English-Konkani Dictionary

2867
Dic → Eng KON
GUR

002867 - 8

2867
Dic → Eng / Kon
GUR


WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
655

22

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
655

BASTI PRAKASHANA
BASTI GARDENS
THUMBE - 574170
BANTWAL (D. K.)
KARNATAKA STATE

ENGLISH – KONKANI DICTIONARY

इंग्लीश – कोंकणी शब्दकोश



Gurunath Kelekar
गुरुनाथ केळेकार



1994

FOCUS PRESS PRIVATE LIMITED
MALLESWARAM – BANGALORE 560 003

Rs. 350/-
(Outside India US$ 25)

English-Konkani Dictionary

© 1994 by Gurunath Kelekar.
All rights reserved. Published in 1994.

B, GUR (N94

Published by
Focus Press (P) Ltd.
139, 8th Main, 12th Cross
Malleswaram, Bangalore -- 560 003, India.

ISBN 81-900484-0-6

The export rights of this book are vested solely with the publisher.

Printed by
Verba Network Services, 139, 8th Main, 12th Cross, Malleswaram, Bangalore -- 560 003
at St. Paul's Press, 8th Mile, Tumkur Road, Nagasandra, Bangalore -- 560 073

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No :002867

BASTI PRAKASHANA
BASTI GARDENS
THUMBE - 574170
BANTWAL (D. K.)
KARNATAKA STATE

Dedicated
to
Hugo de Souza

ह्युगो द सोव्जा
हांकां अर्पण





655

BASTI PRA[illegible]
BASTI GARDENS
THUMBE - 574 170
BANTWAL (D. K.)
KARNATAKA STATE

INTRODUCTION

The great Indian saint, Tukaram, amassed a wealth of words throughout his lifetime. He treasured his words: "We live in the midst of precious words. Let us preserve these weapons of our life. Let us distribute this wealth of words among people because in them resides the Lord. Let us worship Him."

Saint Tukaram achieved knowledge through his love for words. He spread the divine message among the people with these precious jewels that convinced him that they 'the words' were indeed divine.

Saint John, in the New Testament, is yet another example of a visionary. "In the beginning was the Word and the Word was with God, and the Word was God", so said John.

In the 'Mimansa' philosophy the Word is regarded as everlasting, 'शाश्वत'. It is the essence of all being, चैतन्य. Words have given courage to man and hope whenever he was depressed. They have pinched him like thorns and at times deprived him of his sleep. Sometimes they have chained him to society, or they have rescued him from its clutches. They have hurt him or they have provided solace for his ills. Words are so powerful, they have changed his life. They have led to friction or wars among people of different religions, castes, creeds or nationalities.

Words have also been fruitfully used. They were sung even prior to the advent of the printing press. They were dressed in moods and rhythms through the use of the vocal chords and recited so that they were firmly registered in the mind and memory of man. The wisdom of ancient Vedas, our heritage, has thus been handed down to posterity through recitation.

Since man's evolution about a million years ago he has propped himself on words in the acquisition of knowledge. The need to communicate helped enrich his vocabulary and even to create new words to describe ideas and objects in his surroundings. He even learnt to borrow words from other languages to satisfy his needs.

The necessity to communicate with others created the need to compile dictionaries, so that words in common use may not get lost in time. The dictionary thus helped to consolidate the meaningful position of the word, that had come of age. Eventually, bilingual dictionaries were created to facilitate communication among people of different tongues.

Konkani language is reputed to have given us the first dictionary in 1567. Missionary priests of Rachol (Raitur) Seminary compiled the first ever dictionary in any Indian language giving 15000 Konkani words and their vocables in Portuguese. Later, during the period between 17th and 19th centuries, two more dictionaries were added to our treasure. One in Portuguese-Konkani by Father Diego Ribeiro and another Konkani-Portuguese by Father Michael Almeida. However, the greatest contribution to Konkani lexicography emerged towards the end of the 19th century by Monsignor Dalgado. His two dictionaries Konkani-Portuguese and Portuguese-Konkani may be regarded as the proudest lexicographic possession, worthy of any language.

Besides these important contributions as above, there were then at least seven to eight small and big dictionaries available in Konkani. Of these the one by Father Maffei is highly esteemed by experts.

However, all these dictionaries referred to Konkani against the vocables of other languages or vice-versa.

There was no dictionary available where Konkani words were meaningfully described in Konkani language. Late Prof. Ramachandra Shankar Nayak undertook this task, but to our misfortune his work remained unfinished.

In the year 1979, Shri Shripad R. Desai, an ardent follower of Shenoi Goembab, single-handedly shouldered this responsibility and completed his work after years of dedicated service to the cause of Konkani. He deserves our gratitude. Similarly courageous efforts are underway by Shri Pandurang Bhangi. While manifesting happiness at the uniqueness of this comprehensive work, I restrict myself only to make a mention of his work here.

Today English dominates. Its influence in our daily life is so intense that we are beginning to realise that, at least in Goa, not many of us are fully conversant with it and the majority of us are totally ignorant in it. We are so dependent on this language in our day to day affairs, besides it being a medium of instruction in our schools and colleges, that the need of the time was a good English-Konkani Dictionary. Shri Gurunath Kelekar's dictionary fills this vacuum.

In Gujarati, there goes a saying that literally translated means, "Each one with his own work, any other person alien to this work would only create chaos." As such the compiling of a bilingual dictionary assumes that its author is a serious student of both the languages. This fact will not suffice. He must sit for hours together and patiently let the words of both languages speak to him and to each other. In brief, we may say that a lexicographer has to be a devotee (साधक).

Knowledge, courage and steadfastness are the attributes required of a lexicographer, and these are well entrained in Gurunathbab Kelekar, as evidenced from his work.

It is well-known that in the present times, without

official, financial support no author will undertake such a laborious task. That Gurunathbab, without the support of the government or the academy, has undertaken the preparation and the completion of this dictionary, is extremely praiseworthy. He has indeed shown that if there is determination and commitment any person can have the capacity to tackle the most arduous task single-handedly. For those Konkani lovers who have felt paralysed and unable to move without governmental aid, here is an example that they can emulate.

Deficiencies or shortfalls? Surely yes. They are bound to be there. Gurunathbab himself maintains that he has revised the proofs of the present edition twice and yet he is not sure it will be free of any mistakes if he happens to look at it again. Let us not forget that no dictionary is ever complete and perfect after its first edition. It improves as it is revised and re-edited a few times until it attains perfection. Even Oxford and Cambridge dictionaries have undergone many revisions and editions before they have reached the present acceptable stage. Let us hope that the present edition of 1994 of Gurunathbab's English-Konkani dictionary meets with revisions and fresher editions.

With this contribution Gurunathbab has not only filled the need of the time, but has also gloriously garlanded the Konkani Goddess of Learning and has achieved yet another milestone in his personal life. As a Kelekar he is already close to me; as a comrade in the Konkani movement I have great regard for him; now seeing the fruit of his labour in this English-Konkani dictionary, I am even more proud of him.

Priol, Goa. **Ravindra Kelekar**

BASTI PRAKASHANA
BANTWAL (D.K.)
KARNATAKA STATE

येवकार

तुकारामान आयुष्यभर अुतरांचेंच धन अेकठांय केल्लें. अुतरांचीच जतनाय घेवपाचें काम केल्लें. अुतरांचें मोल ताका बेस बरें समजल्लें. तो म्हणटा :

आम्हा घरीं शब्दांचींच रत्नें।
शब्दांचींच शस्त्रें यतन करूं ॥१॥
शब्दचि आपुल्या जीवाचें जीवन ।
शब्दें वाटूं धन जनलोकां ॥२॥
तुका म्हणे पाहा शब्दचि हा देव ।
शब्देंचि गौरव पूजा करूं ॥३॥

तुकारामाक गिन्यान जोडपाक अुतरांच अुपकारा पडिल्लीं. भोंवतणच्या लोकांक गिन्यान दिवपाक अुतरांच ताच्या आधाराक आयिल्लीं. अुतरां हींच तार्ची 'रत्नां' जाल्लीं. अितलेंच न्हय, अणभवान तो अुतरां म्हळ्यारूच देव ह्या निर्णयार पाविल्लो.

अेक साक्षात्कारी संत आशिल्लो तो.

होच साक्षात्कार नव्या तेश्तामेन्ताच्या जॉनाकूय जाल्लो. In the beginning was the Word, and the Word was with God, and the Word was God अशें ताणें म्हळ्ळें.

तुकारामा सारकोच दिश्टावो ताकाय जाल्लो.

मीसांसकांनी अुतराक 'शाश्वत' म्हळां. ताका चैतन्याचेंच अेक रूप मानलां. खासा चैतन्यूच लेखलां. अुतरां मनशाक धीर दितात. निर्शेल्ल्याक आशेचें किर्ण दाखयतात. केन्ना कांट्यां सारकीं तोपून ताची न्हीद खळयतात. केन्ना संवसाराकडेन ताका बांदून दवरतात. केन्ना सगळ्या बांदपासांतल्यान सोडोवन ताका मेकळों करतात. केन्ना घायूय करतात, तर केन्ना वखद म्हूण घाय पेखोवपाकूय धांवन येतात. अुतरांनी मनशाचीं जिवितां मुळासावन बदलुनूय अुडयल्यांत. केन्ना केन्ना मनशां मनशां मजगतीं, जातीं जमातीं मजगतीं, देशां देशां मजगतीं झगडीं-झुजांय पेटयल्यांत.

अुतरांचो बरो अुपेगूय जाला. वायटूय जाला. बरोवपाची कला मनशान सोदूंक नाशिल्ली त्या वेळार अुतरां आपणाक छंदांनी बांदून घेतालीं आनी मनशाल्या ताळ्या-गळ्याच्या आधारान ताचे तकलेंत थीर रावतालीं. हजारां वर्सां आदले वेद आमकां हेच भाशेन मेळ्ळ्यात. संवसारांतलो सगळो लोकवेद हेच भाशेन तिगून अुरला.

मनीस मनीस जाला तेन्ना सावन तो आपणाक अुतरांच्या आधारान अुक्तायत आयला आनी अणभवान तो जसो जसो गिरेस्त जायत गेला तशीं तशीं ताचीं अुतरांय अर्थान अुपाट भरत गेल्यांत. मनीस सदां नवीं नवीं अुतरां घडयत आयला तशीं दुसऱ्यांकडल्यान नवीं नवीं अुतरां घेतूय राबला.

अेक दीस मनशान कोश रचपाक सुरवात केली. आनी जीं अुतरां जिबेर घोळटालीं – आनी केन्ना केन्ना जिबे वयलीं गळनूय पडटालीं – तीं ताणें तातूंत गुथून काडलीं. तेन्ना सावन अुतरांचें आयुष्यूय वाडत गेलें. आनी तेन्ना सावन अेकामेकांच्यो भासो शिकपूय लोकांक सोपें जालें.

कोंकणी भाशेंत पयलो कोश आयलो तो 1567 वर्सा. रायतुरचे सेमिनारींतल्या कांय पाद्रींनी रचिल्लो हो कोश सुमार पंदरा हजार कोंकणी अुतरांचो पुर्तुगेजींत अर्थ सांगपी आशिल्लो. जाणकार ह्या कोशाक देशी भासां मदलो पयलो-वयलो कोश लेखतात. अुपरांत, सतराव्या सावन एकुणिसाव्या शतमाना मेरेनच्या काळांत आनीक दोन म्हत्वाचे कोश आयले. अेक, पाद्री दियोगु रिबैरीचो आनी दुसरो पाद्री मिंगेल द आल्मैदाचो. पयलो कोंकणी-पुर्तुगेज आनी पुर्तुगेज-कोंकणी. तर दुसरो, कोंकणी-पुर्तुगेज. कोशांचे हे वळेरेत सगळ्यांत चड मोलादीक भर घाली ती एकुणिसाव्या शतमानाचे अखेरेक मोंसिन्योर दाल्गादु हांणी. तांणी दोन कोश रचले – अेक, पुर्तुगेज-कोंकणी आनी दुसरो, कोंकणी-पुर्तुगेज. खंयचेय भाशेक अभिमान दिसचो हे तेरेचे हे दोनूय कोश आशिल्ले.

ह्या कोशां भायर आनिकूय सात आठ लहान व्हड कोश कोंकणी भाशेंत ते मुस्तींत आयल्यात. हांच्यांतल्या फादर मापेयच्या कोशाक जाणकार खूब लेखतात.

पुणून हे सगळे कोश कोंकणी भाशेंतल्या अुतरांचो दुसरे खंयचेय भाशेंत वा दुसरे खंयचेय भाशेंतल्या अुतरांचो कोंकणी भाशेंत अर्थ सांगपी आशिल्ले. कोंकणी-कोंकणी कोश कोंकणींत नाशिल्लो. तो रचपाचो वावर आचार्य रामचन्द्र शंकर नायक हांणी आपणाल्या आंगार घेतिल्लो. पुणून आमच्या पाड्या नशिबान तो अर्दकुटोच अुरलो. अखेरेक हो वावर स्वतंत्र रितीन शणै गोंयबाबाले अेक शिष्य भौ. श्रीपादबाब देसाय हांणी आपणाल्या हातांत घेतलो आनी तो पुर्णूय केलो. अेक हाती ह्या धाडसाची तोखणाय करीत तितली थोडीच म्हणूंक जाय.

असलोच अेक धाडसी वावर भौ. पांडुरंगबाब भांगी हाणी आपणाल्या आंगार घेतला. पुणून ह्या वावराची जातूच वेगळी जाल्ल्यान ताचो हांगा फकत अुल्लेख करुनूच संतोस मानचो पडटा.

आयज अिंग्रजी बगर कोणाचें पावल अुखलना. आनी अिंग्रजी ही

अशे तरेची अेक भास की जी गोंयांत चडशी कोणाक सारकी येना, आनी भौसाचे जिबेर तर ती निखालूस घोळना. तरी आसतना, आयज आमचे सगळे वेव्हार अिंग्रजींतल्यान चलपाक लागल्यात आनी शिक्षण लेगीत सगळ्यांक अिंग्रजींतल्यानूच मेळपाक लागलां. अशा वेळार, मुखेल अिंग्रजी अुतरांचे कोंकणींत पर्याय दिवपी आनी तांचो अर्थ समजावन सांगपी अेक अिंग्रजी-कोंकणी कोश कोंकणी लोकांच्या हातांत दिवप ही काळाची अेक व्हड गरज जावन पडिल्ली. वाचप्यांच्या हातांत आसा तो हो कोश काळाची ही गरज भागयता. हो सुमार 16000 हजार अिंग्रजी अुतरांचो कोंकणींत अर्थ सांगपी अेक नवो अिंग्रजी-कोंकणी कोश.

गुजराती भाशेंत अेक म्हण्णी घोळटा – 'जेनुं काम तेनाथी थाय, बीजो करे तो गोतां खाय'. पेंवंक येतल्यानूच पेंवपाक दर्यांत अुडी घेवंक जाय. पेंवंक येनासतना दर्यांत अुडी मारली जाल्यार मनीस बुचकळ्योच मारतलो. तशें, तें तें काम त्या त्या मनशानूच करूंक जाय. कोणेंय खंयचेंय काम करपाचें न्हय. कोश रचप हें 'कोणाचें'य काम न्हय. 'त्यास पाहिजे जातीचे'. पयली गजाल म्हळ्यार, असलो द्विभाशीक कोश रचतलो दोनूय भासांचो अभ्यासक आसूंक जाय. दोनूय भासांचीं अुतरां ताचेकडेन मेकळेपणान अुलयतात अशें जावंक जाय. आनी दुसरी गजाल म्हळ्यार, अेके कडेन बसकण मारून कांय वर्सां वरांचीं वरां अुतरांकडेन अुलयत बसपाचो धीर त्या मनशाच्या आंगांत आसूंक जाय. अेका वाक्यांत सांगचें जाल्यार, कोश रचपी मनीस दृढप्रतिज्ञ साधकूच आसूंक जाय. अभ्यासकाचे, धीरवानाचे आनी दृढप्रतिज्ञ साधकाचे गूण हो कोश रचतल्या भौ. गुरुनाथबाब केळेकारांच्या आंगांत बेस बऱ्या प्रमाणांत आसात म्हणपाचें हो कोशूच स्पश्ट तरेन आमकां दाखोवन दिता.

तिसरी गजाल: हार्लीसराक असलीं कामां सरकारी आधाराबगर कोणूच खंयचेच कडेन करिनात. गुरुनाथबाबांनी ह्या कोशाचें काम कोणाचोच – सरकाराचो, अकादेमीचो वा खंयचेय संस्थेचो – कसलोच आधार घेनासतना केला, हें म्हत्वाचें. पोटतिडक आसत आनी ध्यास घेवन मनीस खंयच्याय कामा फाटल्यान लागत जाल्यार कर्तुत्वी मनशाच्यान केदेंय व्हड काम अेका हातान करूंक जाता हें गुरुनाथबाबांनी बेस बरें दाखोवन दिलां. सरकारी आधाराचेर नदर लावन बशिल्ल्यान अपंगूळ जावन पडिल्ल्या कोंकणी भक्तां मुखार तांणी बऱ्यांतली बरी अेक देख दवरल्या.

अुर्णी? जायतीं मेळटलीं. खासा गुरुनाथबाबांनीच हाचे वयल्यान दोन फावटीं हात भोंवडायला, हाचे वयल्यानूच कोशांत अुर्णीं आसतलीं अशें म्हणूंक जाता. तिसरे फावट हात भोंवडायत जाल्यार खासा तांकांच आनीक अुर्णी मेळटलीं. कोशाचें काम अेके आवृत्तेन केन्ना पूर्ण जायना. दुसरे

आवृत्ते वेळार कोश हाच्याकूय बरो जातलो. तिसरे आवृत्ते वेळार ताच्याकूय बरो जातलो: अशें करीत तो पूर्णत्वा लागसार पावतलो. ऑक्स्फर्ड आनी कैंब्रिजचे अिंग्रजी-अिंग्रजी कोश हेच भाशेन अिल्ले अिल्ले करून कितल्याशा आवृत्त्यां अुपरांत पूर्णत्वालागसार पावल्यात. गुरुनाथबाबांक हेच भाशेन आपणालो हो कोश पूर्णत्वाकडेन पाविल्लो पळोवंक मेळ्ळें अशें देवालागीं मागतां.

ह्या कोशाच्या रुपान गुरुनाथबाबांनी कोंकणी सरस्पतीच्या गळ्यांत शंबर पोवनांची अेक गळसरी घाल्या आनी आपणालें जिवीत कृतकृत्य केलां. अेक केळेकार म्हण तांचेविशीं आपलेपण आशिल्लें. कोंकणी चळवळींतले अेक कर्तुत्वी सांगाती ह्या रुपान मनांत भौमानूय आशिल्लो. आयज तांचो हो कोश पळेल्या अुपरांत तांचे विशीं म्हाका अभिमान दिसलो जाल्यार तातूंत अजाप कसलें?

प्रियोळ, गोंय.

रवीन्द्र केळेकार

XIII

फाटभूंय

दर एका शिक्षिताच्या घरांत शब्दकोश आसताच. कठीण लागतात त्या उतरांची शब्दकोश आमकां समजाविशी दितात. इंग्लीश भास गरजेची जाल्ल्यान हे भाशेच्या उतरांची समाजाविशी दिवपी शब्दकोश चडशे जाण आपणाकडेन अगत्यान दवरतात. कांय जाणांकडेन इंग्लीश-इंग्लीश, तर कांय जाणांकडेन तांच्या तांच्या गरजांप्रमाण इंग्लीश-हिंदी, इंग्लीश-मराठी, इंग्लीश-कन्नड अशे एक वा चड कोश आसतात. आतां मेरेन आमचेकडेन इतालीयन पाद्री माफेय हांचो (1883) धरून इंग्लीश-कोंकणी (रोमी) दोन तीन शब्दकोश आशिल्ले. आतां हो सुमार 16000 उतरांचो पयलोच इंग्लीश-कोंकणी (नागरी) शब्दकोश वाचप्यांक मेळटा.

कोंकणीच्या मळावयलो भुरगेपणासावन हांव एक वावुरपी. म्हजे तांकीप्रमाण कोंकणी मायेपासत हांवें कांय विधायक वावर केला. हो वावर करतना कोंकणी नेमाळ्यांचें संपादन, भुरग्यांखातीर पुस्तकां रचून तांचें प्रकाशन, कोंकणी दिसाळ्यापासत आख्ख्या गोंयची पांयभोंवडी, गोंय आनी गोंयाभायर कोंकणी पुस्तकांचीं प्रदर्शनां आनी विक्री (कोंकणी साहित्य यात्रा), भुरग्यांचीं पुस्तकां घेवन शाळांक भेटो (चाचा नेहरूंची भुरग्यांक भेट) ह्यो आनी अशो कांय कार्यावळी हांवें चलयल्ल्यो आसात.

हांतल्या 'कोंकणी साहित्य यात्रा' आनी 'चाचा नेहरूंची भुरग्यांक भेट' ह्या दोन कार्यावळीं वेळार लोक करताले तो एक प्रस्न म्हाका सदांच निरुत्तर करतालो. 'इंग्लीश-कोंकणी डिक्शनरी हाडल्या व्हय तुमी?' हो तो प्रस्न. ह्या प्रस्नान म्हाका हो कोश रचूंक प्रवृत्त केलो म्हळ्यार जाता.

तशें पळोवंक गेल्यार, एकादरो कोश हांव रचतलों अशें हांवें धरूंक नाशिल्लें. ना म्हळ्यार, गोंय मुक्ती आंदोलनांत आग्वादच्या देवळांत रावपाचें भाग्य म्हाका मेळ्ळें तेन्ना शणै गोंयबाब हांचे बरपावळींतलीं सुमार साडेस हजार उतरां हांवें पुंजायल्लीं. थोर स्वातंत्र्यसेनानी भोवमानेस्त पांडुरंगबाब मुळगांवकार (वकील) हांचो वडिलांचो म्हणूं येत असो सांगात थंय म्हाका ह्या कामांत मेळिल्लो. वर्णानुक्रमान आमी ह्या उतरांचो संग्रह केलो. इतल्यांत म्हजी सुटका जाल्ल्यान ह्या उतरांचो गठ्ठो घेवन हांव घरा परतलों. मजगतीं, इतल्या वर्सांच्या काळांत म्हजेकडल्यान वयर सांगल्या ते आनी हेर भाशेन कोंकणीची सेवा घडली खरी, पूण तो वावर मात बासनांतूच उरलो.

पूण पुस्तक प्रदर्शनां उपरांत आनी शाळांनी गेले उपरांत म्हज्यान सस्त बसूंक जायना जालें. एकादऱ्या इंग्लीश-कोंकणी शब्दकोशाची आज कितली गरज तें म्हाका कळिल्लें. परिणामी, ह्या तळमळ्यांनी आनी शणै गोंयबाबांचे शब्दसासायेन दोन वर्सां म्हाका दीसरात कामाक लावन म्हजेकडल्यान हो कोश करून घेतलो.

हो कोश सुर्वेक मडगांव गोंयच्यान उजवाडा येवपी 'सुनापरान्त' कोंकणी दिसाळ्यांत 15-6-1992 सावन 26-8-1993 मेरेन 427 अंकांचेर उजवाडा आयलो. ह्या कामाक ज्या ग्रंथांची गरज आशिल्ली तांतले कांय म्हजेकडेन आशिल्लेच. कांय

हांवें फैदा केले. हांतल्या मों. दालगाद हांच्या पुर्तुगेज-कोंकणी (1905) आनी कोंकणी-पुर्तुगेज (1893) शब्दकोशांचो म्हाका सुमाराभायर उपेग जाला हें तांच्या पवित्र उगडासाक नमन करून सांगन दिसता. शणै गोंयबाब हांचे बरपावळींतल्या उतरांचोय म्हाका उपेग करूंक मेळ्ळो हें सांगतना म्हाका संतोस भोगता.

हो कोश ग्रंथरुपांत उजवाडा आयिल्लो पळोवन सुनापरान्ताचे संपादक बाब राजू नायक हांकां खूब आनंद जातलो. सुनापरान्तात आदीं हो कोश दिसपडटो दिवचो ही म्हजी सुचवण ताणी उखलून धरिल्ल्यान तो धारेन दिवक मेळ्ळो. सुनापरान्ताचे मॅनेजर श्री. सदानंद दळवी आनी छापखान्याचो कर्मचारी-वर्ग हांचोय ह्या कामाक पालव मेळ्ळो.

प्रत्यक्षांत हो कोश रचतना मडगावचे बाब महादेव नाडकर्णी हाणी उतराकणकणी म्हाका सांगात दिलो. सांगात कोंकणी उतरांची पुरवण करून आनी सांगात फाटबळाचीं उतरां दिवन. तिनूय त्रिकाळ आपल्या वेवसायांत व्यग्र आसतना ताणी दर दिसा ह्या कोशाक काय वरा दिल्लीं आसात. प्रसिद्धीपासून पयस रावतल्या श्री नाडकर्णी हांकां छंद कोंकणी उतरां पुजावपाचो. हो छंद ताकां जळा-मळा व्हरता ल्हाना-व्हडाकडेन उलोवक लायता. अभ्यास आनी चिंतन हे तांचे दुसरे नाद. ह्या कोशाचे जमेचे बाजूक बाब महादेव नाडकर्णी हांचो समर्थ हातभार लागला. ग्रंथरुपान हो कोश पळोवन ताका म्हजेइतलीच खोस जातली.

हाचेखेरीज डॉ. जयवंतराव भा. सरदेसाय हाणी वेळोवेळ केल्लें मार्गदर्शन, कोंकणी विश्वकोशाचे संशोधन सहाय्यक बाब मुकेश थळी आनी अभ्यासक बाब दामोदर घाणेकार हाणी लायिल्लो हातभार हांकां लागून म्हजो भार उणो जालो.

म्हजी घरकान्न श्रीमती कुमुदिनी केळेकार हांचो ह्या वावरांत मोटो वाटो आसा. घरकान्न ह्या नात्यान घरांत स्वास्थ्य आनी प्रसन्नताय, आनी पूर्वकाळची शिक्षिका जाल्ल्यान कोशरचनेच्या वावरांत प्रत्यक्ष सल्लो आनी मार्गदर्शनूय ताचेकडल्यान मेळ्ळां. ह्या दोन वर्सांत कोंकणी आनी इंग्लीश उतरांच्या अर्थांनी, अर्थांच्या सयांनी, इतलेंच न्हय तर प्रत्यक्ष खासा ह्या उतरांनी आमका सांगात दिवन आमचे गिन्यान वाडयलाच, वांगडा रंजनूय केलां.

हो कोश सुनापरान्तांत उजवाडा येतना 'तुजें हें कार्य सदांकाळ उरतलें' म्हणपाचो आशीर्वाद रवींद्रबाबान धाडलो. आनी ह्या ग्रंथाक आतां ताणी 'येवकार' दिला. म्हणटकूच दुसऱ्या कसल्या पुरस्काराची हावें अपेक्षा करची ?

हो कोश सुनापरान्तात दिवन जालेउपरात गोंयच्या शिक्षणीक मळावयल्या काय मानेस्तांनी ह्या वावराचें कौतुक करून, तेचभाशेन कांय प्रकाशकानी हाचें मोल वळखून तो उजवाडावपाविशी प्रस्ताव धाडले. दुसरे वाटेन, ह्या वावराक गोंयाभायरूय प्रसिद्धी मेळिल्ल्यान, दिल्ली, मुंबय आनी बंगळूरच्या काय प्रकाशकानी चवकशी केली.

म्हणटकूच ग्रंथप्रकाशनाचो वावर कोणा सुवादीन आनी केन्ना करचो इतलेंच म्हजेमुखार उरलें. सुनापरान्तांत छापून आयिल्ल्या पानांचेर परतून एक फावट

हात भोंवडावंक जाय हें म्हाका कोणें सांगपाची गरज नाशिल्ली. ह्या हात भोंवडावपाच्या वावरान म्हजे आनीक स म्हयने घेतले. हांतले A सावन Z मेरेनचें उतरान उतर हांवें नव्यान तपासून बरोवन काडलां. ग्रंथापासत कंपोज करतना हो मजकूर व्हडल्या अक्षरांनी दिवपूय गरजेचें आशिल्लें.

आयिल्ल्या प्रस्तावांतल्यान बंगळूरचो 'फोकस प्रेस प्रायवेट लिमिटेड' हांचो प्रस्ताव आमी वेंचून काडलो. तांणी मोटे उमेदीन ही जबाबदारी पत्करून थोड्याच काळाभितर सोबीत सुंदर रुपांत हें इंग्लीश-कोंकणी अर्थभांडार कोंकणी वाचप्यांच्या हातांत दिलां. ह्या वावरांत कंपोजिंग करपाखातीर तांणी मडगांवच्या तन्वी ग्राफिक्सचो आधार घेतलो. तन्वी ग्राफिक्सचे श्री. राजेश भाटीकार हाणी हो वावर आपलोच मानून मन लावन केलो हें ह्या शब्दकोशाचीं पानां चाळटल्यांक जाणवलेबगर रावचेंना.

दर एके भाशेंत नवे नवे कोश येत रावतात. भाशेच्या विकासाची ती नाट म्हणूं येत. आमचे भाशेंतूय हे मुखार तरेकवार ल्हान व्हड कोश येत रावतले. येवंक जाय.

ह्या कोशाचें म्हत्व हो नागरी लिपींतलो इंग्लीश-कोंकणी पयलो-वयलो शब्दकोश जावन आसा हातूंत आसा हें जालेंच, पूण तो ह्या खिणाक एक मोटी गरज भागयतलो हातुंतूय आसा. आमच्या शाळांनी आज हजारांनी भुरगीं शिकतात. तांकां हो कोश अभ्यास सोपो करतलो. सरकारी कामकाजांत कोंकणीचो वापर जावंक लागला. हांगाय ह्या कोशाचो उपेग जातलो. हे नदरेन पळयल्यार, ह्या कोशांत कितें ना हाचेपरस ह्या अर्थभांडारांत कितें आसा हाचेकडेन वाचप्यांचें लक्ष वतलें असो म्हाका भरवंसो आसा. हातूंत सुमार सोळा हजार इंग्लीश शब्दांची लाखभर कोंकणी उतरांनी समजाविशी दिल्ली आसा. टायप तर सामको ओडलायणो, मांडावळ सामकी सोपी आनी सट् करून समजुपासारकी. परिणामी, चालंत वाचप्यांक आनी एस.एस.सी. बारावी मेरेनच्या विद्यार्थ्यांक सामान्यतायेन येतात तीं अदिकशीं उतरां – इंग्लीश तशीं कोंकणी – ह्या पांचशीं पानांच्या अर्थभांडारांत सांपडटलीं. ताच्या ह्याच गुणाक लागून तो तांचो सदांकाळचो एक गरजेचो सांगाती जावन उरतलो आनी दिशींमाशीं तांची इश्टागत वाडत वतली अशी हांव आस्त बाळगितां.

ह्या कोशांतलीं उतरां चाळणींत घालपाचो वावर करीत रावचो पडटलो हाचें भान परगटावन वाचप्यांमुखार हें अर्थभांडार दवरतां.

कामत बिल्डींग,
श्रीहरिमंदिरालागीं,
मडगांव-गोंय.

गुरुनाथ केळेकार

ABBREVIATIONS

adj	adjective	n	noun
adv	adverb	prep	preposition
conj	conjunction	pron	pronoun
int	interjection	v	verb

(घो) घोळटीक

चवाय : कोंकणी अर्थ दितना कसांतली उतरां पतीक दिल्यांत हें लक्षांत घेवचें.

REFERENCES :

1. The Concise Oxford Dictionary
2. The Pocket Oxford Dictionary
3. The Collins English Dictionary
4. Chambers Concise Usage Dictionary
5. The New Method English Dictionary
6. Words : A Simple Dictionary
7. Angrezi Hindi Kosh (Bulke)
8. The Modern English Hindi Dictionary (Anand)
9. Meenaxi English Hindi Dictionary
10. Standard Dictionary of Hindi Language
11. Rashtrabhasha Hindi Marathi Kosh
12. A New Approach Dictionary of Living English
13. K B Virkar Dictionary (English-Marathi)
14. Student's Modern Dictionary (English-Marathi)
15. Subodh Marathi Ingraji Shabdakosh
16. Portuguese Konkani Dictionary (Dalgado)
17. Konkani Portuguese Dictionary (Dalgado)
18. Dicionario Pratico Ilustrado
19. English Konkani Dictionary (Maffei)
20. Collins Portuguese Dictionary
21. Konkani Shabdakosh 4 Parts (S. R. Dessai)
22. Konkani Konkani Shabdakosh (S. Hedo)
23. Maharashtra Shabdakosh 8 Parts
24. Marathi Vishvakosh : Paribhasha Sangraha (Joshi)
25. Samazshastr Paribhasha Kosh
26. Bharatiya Vyavahar Kosh (Naravane)
27. Sanskrut Shabdakosh (Apte)
28. A Collection of Konkani Words used by Saennoi Goembab in his writings (not in book form).

BASTI PRAKASHANA
THUMBE - 574 170
BANTWAL (D. K.)
KARNATAKA STATE

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
655

A a

A a रोमी अक्षरमाळेचें पयलें अक्षर.

a, an (art) एक; कोणूय खंयचोय एक; प्रती एक; दर एक.

aback (adv) फाटल्यान; फाटलेवटेन; **to be taken aback** अजापान थटाकप; चकासूर जावप; कांचवेवन आंग काडप.

abacus (n) आंकडे मेजूंक शिकोवपाचो गुटयांचो फळो; गणफळो; गुटयां-फासकी.

abaft (adv) होड्याचे फाटलेवटेन; येऱ्याकडेन.

abandon (v) (आलाशिऱ्याची गरज आशिल्ल्याक) त्यागप; वाऱ्यार सोडप; उबंत उडोवप; □ (आस्त) वगडावप; □ (खेळ वी सुरू जावचेपयलींच) सोडप; • **(n)** मनमेकळीक; □ स्वैरताय; □ वसूपण.

abase (v) अपमानावप; हिणसावप; इज्जत काडप; इज्जत वगडावप.

abash (v) गळसणांवप; गोंदळावप; □ लजोवप; • **abashed (adj)** गळसणलेलो; गोंदळ्ळेलो; कांचवेल्लो; □ लजेल्लो.

abate (v) उणो करप; उणो जावप; ल्हान करप वा जावप; बळ उणें करप वा जावप; • **abatement (n)** थंडावणी; धातारणी; उपशमन.

abatis (n) झाडाच्या खुट्यांची, निवलांची बी वंय; आडावण.

abattoir (n) मांसाखातीर गोरवां बी मारचेली सुवात; कत्तलखानो; खाटीकखानो.

abbess (n) मठस्वामिनी.

abbey (n) मठ.

abbot (n) मठस्वामी; मठाधीश.

abbreviate (v) संक्षेप करप; अर्थ बदलनासतना अक्षरां वा उतरां उणीं करप (देख: **adjective = adj**); • **abbreviation (n)** संक्षेप.

abdicate (v) दायज सोडप; अधिकाराचो त्याग करप; अधिकारान आयिल्लें राजपद सोडप.

abdomen (n) पोट; उदर; कोठो; • **abdominal (adj)** पोटासंबंदीत; कोठ्यासंबंदीत; • **abdominous (adj)** धोनयो; (विनोदान) दुदीरमण (व्यक्ती).

abduct (v) (ल्हान, व्हड व्यक्तीक) फुसलावन घेवन पळप; उबारून व्हरप; अपहरण करप.

aberration (n) विकृताय; विकटाय; आडमार्गान वचपाची करणी; बुद्दीक लागिल्लें चळ; • **aberrant (adj)** आडमार्गी.

abet (v) नश्टे करणेक फाटबळ दिवप, मजत करप; वायट करणी करूंक कोमार

काडप; **abettor (n)** नश्टे करणेक वा वायट करतल्याक पालव दिवपी.

abeyance (n) थोड्या कालापुरती कडसरावणी; स्थगिती; **in abeyance** तुर्तांक लागू ना असो नेम.

abhor (v) तिरस्कार दिसप; नाका दिसप; • **abhorrence (n)** तिरस्कार.

abide (v) सहन करप; □ उतराक जागप; मानून घेतिल्ले गजालीक पाळो दिवप.

abiding (adj) सासणाचो; सदांकाळाखातीरचो; तगपी.

ability (n) कुशळताय; योग्यताय; तांक; क्षमता.

abject (adj) मान वा मोल नाशिल्लो; इज्जत नाशिल्लो; कसलींच मत्ता नाशिल्लो; सामको दीन.

abjure (v) चार चौगांत एकादो गजालीचो त्याग करपाचो सोपूत घेवप; • **abjuration (n)** त्याग.

ablation (n) शस्त्रक्रिया करून कुडीचो इबाहिल्लो भाग काडून उडोवप.

ablaze (adj) जळटो, पेटटो; भगभगतो (उजो).

able (adj) कुशळ; फिशाल; (कामाखातीर) लायक; पात्र.

ablution (n) शास्त्राप्रमाण अनवाळो जावप; पवित्र न्हाण.

abnegate (v) जिनो ओड आसा ती वस्त वा गजाल सोडप; • **abnegation (n)** त्याग.

abnormal (adj) चालंताभायलो; सभावीक न्हय असो; अपसामान्य; रीतरिवाजेपरस वेगळो; विक्षिप्त वागणुकेची, विपरीत (व्यक्ती बी); विकृत.

aboard (adv, prep) मोटार, आगगाडी, बोट बी वाहनांचेर वा वाहनांत.

abode (n) घर; मठी; गवतिका (मनशांची तशी कोणाय प्राण्यांची).

abolish (v) (वायट चालती बी) बंद करप; रद्द करप; • **abolition (n)** मनाय; बंदी.

abominate (v) वीट दिसप; तिरस्कार दिसप; • **abominable (adj)** वीट हाडपी; जाचेविशीं हळशीक दिमता अमो.

aborigines (n) मूळ लोक; पुर्विल्ले मनीस; आदिवासी; • **aboriginal (adj)** मूळचो; पुर्विल्लो.

abortive (adj) निश्फळ; • **abort (v)** गर्भपात करप; पोटचे बचप; गर्भपात घडप; • **abortion (n)** गर्भपात.

abound (v) गर्शीनी आसप; चक्कचयाळ आसप; भरिल्लो आसप (बाजार फळांनी भरला).

about (adv) चारूय कुशीनी; हेवटेन तेवटेन; अदमासान; • **(prep)** भोंवतणी; सुमार; संबंदान.

above (adv, prep) वयर; ऊंच; माथ्यार.

abrade (v) खरवडप; खरपप; घांसप; झकटप; गांज येवप; • **abrasion (n)** खरचटणी; गांज.

abreast (adv) एकामेकाक तेंकून; खांदाक लागून; सांगाता; कुशीक; • **abreast of the times** = आयजकाल जें चलता तें जाणा आशिल्लो (ताचे सांगाता चलपी).

abridge (v) (उजवाडा आयिल्ल्या पुस्तकांनी) संक्षिप्त आवृत्ती काडप; (बऱ्यान्तें बरप) संक्षिप्त करप; संक्षेप करप; • **abridgement (n)** संक्षेप.

abroad (adv) देसाभायर; परदेसांत.

abrogate (v) (कायदे, अधिकार) बातील करप; रद्द करप.

abrupt (adj) अचकीतचो (प्रसंग);

ध्यानींमनीं नाशिल्लो; □ (मनीस वागपांत वा उलोवपांत) तुसडो; रुक्ष; □ (दोंगर) नीट उबो.

abscess (n) पुलेल्लो फोड, फोफूड, केसोळी बी.

abscond (v) (कायद्याच्या बचक्यापासून) लिपून रावप; पळून वचप; नाच्च जावप; • **absconder (n)** गुन्याव केलेउप्रांत लिपून रावपी वा पळून गेल्लो मनीस; फरारी.

absent (adj) जाग्यार हजर नाशिल्लो; गैरहजर; अनुपस्थित; • **absent-minded (adj)** आपलेच तनरेंत रावपी देखून विसराळोय बी; भान विसरपी; • **in one's absence** असवडीं.

absolute (adj) आडावण नाशिल्लो; शीम-मेर नाशिल्लो; अमर्याद (सत्ताधीश); □ सामको, पुरतो (पिसो बी); अस्सल; निजाचो.

absolution (n) (ख्यास्तीपासून) सुटका; □ (पातकांतल्यान) मेकळीक; पातकमुक्ती.

absolve (v) गुन्यावाच्या किचांटांतल्यान सुटका करप; गुन्याव सिद्ध जावंक ना म्हण मेकळो करप; □ रिणामेकळो करप.

absorb (v) आंगांत जिरोवप; उदक चिटून घेवप; □ गुल्ल जावप; तनरी लागप; • **absorbent (adj)** चिटून घेवपी; आंगांत ओडून घेवपी; □ तनरी लावपी (संगीत बी); • **absorption (n)** (तींत) चिटप; (उदक) आंगांत जिरोवप.

abstain (v) (व्यसनापासून बी) पयस रावप; जें बरें लागता पूण बऱ्याक पडना तें टाळप; □ आपलें मत दिनासतना रावप.

abstemious (adj) खावपांत, जेवपांत आनी पियेवपांत संयम बाळगुपी; जिबेर शेक दवरपी; • **abstinence (n)** खाणाजेवणाचेर आनी पियेवपाचेर ताबो; भोगवर्जन; संयम.

abstract (adj) येवजणेंतलें; रुपकार नाशिल्लें; अमूर्त; तत्वासंबंदीत; • **(n)** अर्क; सार; सारांश; • **(v)** सार वा अर्क काडप; • **abstracted (adj)** (व्यक्ती) सत्यभास काडिल्ली; चिंतेंत गुल्ल.

abstruse (adj) समजूंक कठीण; गूढ; गटखळ; भितर लिपिल्लो.

absurd (adj) विचित्र; मेळ लागनाशिल्लो; पिशेपणाचो; □ निरर्थक; लोकांक हांसोवपी (खेळ); • **absurdity (n)** विचित्रपण; विक्षिप्तपण; विसंगती.

abundance (n) सुकाळ; खातड; रास; • **abundant (adj)** गडगंज; धे म्हणून; चकचयाळ; चिकार.

abuse (v) वायट उपेग करप; अपमानावप; वायट उतर दिवप; गाळी सवप; आंगार पडप; • **abuse (n)** वायट उपेग; □ गाळ; अपमान; • **abuser (n)** गाळी सवपी; वाटेक वचपी; • **abusive (adj)** अपमानाचो.

abut (v) लागून आसप; शिमेक तेंकप.

abutment (n) पुलाचीं दोन तोंकां पेलपी आधार; दोनूय कुशींचो भार पेलपी वणत; धिगी.

abyss (n) पाताळ; खोलायेचो थाव लागनाशिल्लें ठिकाण; खोल घळ; • **abysmal (adj)** जाचो थाव लागना असो; सामको खोल; अंतपार लागना असो.

academy (n) (घो) अकादेमी; साहित्य, कला, विज्ञानाचे बी उदरगतीपासत घडिल्ली संस्था; खाशेलें शिक्षण दिवपी संस्था; प्रबोधिनी; विद्वानांचो पंगड; • **academic (adj)** बुद्दीक खावड दिवपी; भासाभाशेपुरती (चर्चा); • शिक्षणीक (वर्स); विद्यालय, विद्यापीठ, अकादेमी संबंदीत; • **academic council (n)** विद्यापरिशद.

accede (v) हयकार दिवप; मागणें मानप; इत्सा पुरी करप; □ अधिकाराच्या आसनार बसप.

accelerate (v) गती, वेग बी वाडोवप; गती वाडोवन वचप; • **accelerator** (n) वाहनाची गती वाडोवपी मूठ वा पेदाल; गतीवर्धक.

accent (n) आघात; नेट; आवाजाचेर दिल्लो ताण, घाल्लो भार; ताण दाखोवंक अक्षराचेर बरयतात ती कुरू; □ उलोवपाची खाशेली तरा; • **accentuate** (v) उतरांतल्या अक्षराचेर कुरू घालप; □ भार घालप; म्हत्व दिवप.

accept (v) (मांडिल्लो प्रस्ताव) मानून घेवप; □ मानप; घेवप; पत्करप; • **acceptable** (adj) खोसदिणें; आनदान मान्य केला अशें; मान्य; • **acceptance** (n) मान्यताय; हयकार; स्वीकृती.

access (n) रीग; प्रवेस, • **accessible** (adj) वचूंक सोपो; आडखळीविणें लागीं वचूं येत असो; सुगम.

accession (n) अधिकारप्राप्ती; अधिकारग्रहण; सत्तारोहण; □ मान्यताय.

accessory (n) यत्राक लागपी सुटो भाग; □ वायट करणी करतल्याचो पालवी.

accident (n) (घो) ॲक्सिडेंट; अपघात; □ घटीत; योगायोग; □ म्हत्वाची न्हय अशी गजाल; **accidental** (adj) अपघाती; □ योगायोगाची (भेट); अवातर (गजाली).

acclaim (v) गाजघडघडान येवकार दिवप; सभेत व्हडविकेची तुस्त करप; □ (n) जयजयकार; मान्यताय; पसंती; उमेदीन केल्लें स्वागत; • **acclamation** (n) घणघणीत येवकार; □ विरोधाविणें जाल्ली वेंचणूक.

acclimatize (v) नव्या वातावरणाकडेन जुळोवन घेवप; नव्या वातावरणात रुळप.

acclivity (n) चडाव; चडटी; घाटी; पालसण.

accommodate (v) आसपावन घेवप; राबित्याची तजवीज करप; □ गरजेक पयशे दिवप; □ झगडें पालोवप; • **accommodation** (n) रावपाची सुवात; रावपाची मांडणी; □ (व्यापाराच्या संदर्भात) रीण दिवपाची व्यवस्था; □ नवे परिस्थितीकडेन मेळ.

accompany (v) वांगड वा सांगात दिवप; बरोबर वचप; □ गावप्याक साथ दिवप; • **accompaniment** (n) सांगात; वांगड; □ गावप्यावांगडची साथ.

accomplice (n) (गुन्यावगाराचो बी) वांगडी, सांगाती; सह-अपराधी.

accomplish (v) (कसलीय गजाल) करपात येस जोडप; तडीक पावोवप; सिद्ध करप; • **accomplishment** (n) येस; जैत; सिद्धी.

accord (v) मान्यताय दिवप; प्रदान करप; भेटोवप; • (n) कबलात; थारावणी; हयकार; □ तडजोड; सुमेळ; **accordingly** (adv) ते प्रमाण; थारावणेप्रमाण; परिणामी; अशे तरेन.

accordion (n) एक वाद्य.

accost (v) प्रस्न विचारूंक दुसऱ्याक हटकप; न्हय ते प्रस्न विचारप; वाटेन वतल्याक आडावन सतावप.

account (n) प्रसगाचें वर्णन; तोंडी वा बरयल्लो वाको; नियाळ; □ अधिकाऱ्यामुखार दिल्लो जबाब; □ म्हत्व; मेजमाप; • **accounts** (n) वाशील-वाकयेचो हिशोब; • **to take into account** = हिसपाक धरप; लक्षांत घेवप; • **accountable** (adj) हिसपाक जबाबदार; घडलां ताची रुजवात दिवंक जबाबदार.

accountant (n) व्यापार धंद्यांतलो

हिशोब सांबाळपी व्यक्ती; • **accountancy (n)** हिशोब सांबाळपाची, बरोवपाची विद्या; लेखाशास्त्र.

account book (n) हिसबा-पटी; खात्या-चोपडी.

accredit (v) विस्वासू मानप; विस्वासू जाल्ल्यान जापसालदारकी आंगार घालप; पात्रतायेचें मानपत्र दिवप; □ राजदूत म्हण भार सोपोवप; राजदूत म्हण नेमप; • **accredited (adj)** पतीची (व्यक्ती); सरकारमान्य (व्यक्ती); • **accreditation (n)** सरकारी मान्यताय.

accretion (n) सांठो करून जाल्ली वाड; कुडीक आयिल्ली मोटपाण.

accrue (v) दुडवांत कळंतराची बी भर पडिल्ल्यान वाड जावप; आनीक घालून वाडोवप; भर पडिल्ल्यान वाडप; □ मोटाय येवप.

accumulate (v) जमा जावप; सांठो जावप; जमा वाडत वचप; • **accumulation (n)** संचय; जमा; सांठो; भर; रास; (कळंतराक लागून मुदलांत) जाल्ली वाड; □ (आंगांत चरबेची) जाल्ली वाड.

accuracy (n) अचूकपण; बराबरी; • **accurate (adj)** अचूक; बराबर; जिस्ताजिस्त; मुदयेर थीक कसो.

accursed (adj) अभागी; निर्भागी; श्रापाची बादा जाल्लो; जाका शिराप लागू जाला असो; मालदिंसांव पडला असो.

accuse (v) आरोप दवरप; किचांट घालप; बिरमत घेवप; वायट करणेक जापसालदार म्हण बोट दाखोवप; • **accusation (n)** आरोप; किचांट; बिरमत.

accustom (v) अणभवान संवकळ जावप; संवय जावप.

ace (n) इस्पिकेंतलो एको; □ वस्ताद; शूर; वीर.

acerbic (adj) (उलोवणें, सभाव बी) खर; तीख; • **acerbity (n)** (उलोवपांतली वा सभावांतली) तिखसाण.

acetylene (n) चकचकीत धवी जोत दिवपी एक वायू.

ache (n) आंगाची वा आंगाच्या भागाची फोडाफोड; वेदना; • **(v)** (आंग) फोडप; (तकली) उसळप.

achieve (v) कश्टान मेळोवप; प्राप्त करप; जैत जोडप; • **achievement (n)** कश्टान जोडिल्लें येस; विक्रम; जोड; प्राप्ती; सिद्धी.

acid (adj) आंबट; झणझणीत; □ परपरत तिडपी; उलोवपांत तुसडो; तोडून उलोवपी; • **(n)** तेजाब; आंगार पडल्यार आंग भाजून उडोवपी एक द्रव; □ आंबट जिनस; आमसाण; □ अमरपित्त.

acknowledge (v) (पाविल्ल्याचें) मान्य करप; (पोंच) दिवप; □ व्हडपण, म्हत्व बी मानप; • **to acknowledge receipt of** पाविल्ल्याची नोंद दिवप; • **acknowledgement (n)** पाविल्ल्याची नोंद, पोंच, पावती.

acme (n) तेमूक; तेंगशी; ऊंचांत ऊंचेली सुवात.

acne (n) मुमरांची पिडा; तरणे पिरायेर तोंडार येतात त्यो पुळयो.

acoustic (adj) आवाजासंबंदीत; आयकुपाविशींचो; • **acoustics (n)** ध्वनीविज्ञान; नादशास्त्र.

acquaint (v) वळख करून घेवप वा दिवप; कळीत करप; कळोवप; □ समरस जावप. • **acquaintance (n)** वळखीची व्यक्ती.

acquiesce (v) मोन्यानी हयकार दिवप; (एकादरी गजाल करूंक) तयार जावप; राजी जावप; नाका म्हणिनासतना रावप.

acquire (v) (एकादशी वस्त, गुण, कुशळताय) जोडप, मेळोवप; प्राप्त करप; □ ताब्यांत घेवप. • **acquisition (n)** जोड; मेळयल्ली वस्त; जाल्लो लाव; घाल्ली भर; संपादन.

acquit (v) धरिल्ल्याक न्यायालयान निर्दोश म्हण सोडप; गुन्याव धरना म्हण सोडप. □ रिणांतल्यान मेकळो करप वा जावप. • **acquittal (n)** सुटका; आरोपमुक्ती.

acre (n) (घो) एकर; 4046.80 चवरसणे मीटर (जमनीचे माप) • **acreage (n)** जमनीचें एकरी माप; सगळी जमीन कितली तिची एकरी गणटी.

acrid (adj) (सभावान) खर, तापट, तिडपी; (रुचीक) आंबट; (वासाक) नाका दिसपी; जळजळीत; झोंबपी; (उलोवप) लागसारकें.

acrimony (n) (वागपांतलें, उलौवपांतलें) तुसडेपण.

acrobat (n) नाडेपेन्न करपी; तोकवार लागो मारपी, दोरयेवयल्यान चलपी बी; • **(adj)** वेक्कारगत परपरत उतर बदलपी; धीर न्हय असो; • **acrobatics (n)** नाडेपेन्न; कसरत.

across (adv, prep) (हेरटेतल्यान) तेवटेन; (आलतडच्यान) पलतडी; आरपार.

act (v) वागप; कृती करप; सवांग करप; आव हाडप; • **(n)** वागप, करणी; काम; वावर; □ नाटकाचो अंक; □ अधिनियम; कायदो; □ आव; • **acting (n)** अभिनय; मानवयेवयलें वा नाटकातलें बी काम; □ नाटकी वागणी; • **(adj)** वावुरपी, कार्यकारी (संस्थेचो पदाधिकारी बी).

action (n) करणी; कार्य; क्रिया; कृती; कारवाय; उपाय. • **to take action** = कार्य, कारवाय करप; उपाय घेवप; • **actionable (adj)** जाचेर उपाय घेवंक जाय असो.

active (adj) जड जावन बसपी न्हय असो; वावगत प्रत्यक्ष वांटो घेवपी; वावरूंक फुडें; उद्देगी; क्रियाशील; • **active member (n)** वावुरपी वांगडी; • **activity (n)** उद्देग; कार्य; क्रियाशीळताय; वावर; आटाप; • **activate (v)** क्रियाशील करप; हालचाल करप.

actor (n) नाटकांत, सिनेमांत बी काम, सवंग करपी दादलो; नट; □ कृती करपी.

actress (n) नाटकांत, सिनेमांत बी काम, सवंग करपी बायल; नटी.

actual (adj) आतां आसा, चलता तो; तुर्तांचो; चालत; प्रत्यक्षातलो; • **actually (adv)** सद्याक; तुर्तांक; प्रत्यक्षांत; खरें पळोवंक गेल्यार; • **actual cause (n)** प्रत्यक्षांतलें कारण.

actuary (n) विम्याच्या हिशोबाचो जाणकार; • **actuarial science (n)** विमाविज्ञान.

actuate (v) (यंत्र) सुरू करप; वावराक फुडें काडप; स्फूर्त दिवप; गतींत घालप.

acumen (n) बुद्दीची बारिकसाण; समजुणचो कळाशी आनी ताक; चाणाक्ष नदर.

acute (adj) तीव्र; तीक्ष्ण; बारिकसाणेचो; शिटूक; चाणाक्ष; • **acute angle (n)** 90 अंशापरस उणो कोन; लघुकोन.

adage (n) जाणट्यांची अणभवाची सांगणी; ओपार; म्हण.

adamant (adj) वें म्हणना तसलो; वागवना वा मोडना असो; वज्राभाशेन घट.

adapt (v) नवे परिस्थितीकडेन जुळोवन घेवप; जाय तसो बदलप; अनुकूल जावप; □ जिस्ताजिस्त बसोवप; • **adaptation (n)** नाटकाचें बी रुपांतर; नवे परिस्थितीकडेन

जुळयल्ली गजाल. • **adaptive (adj)** जुळोवन घेवपी; • **adaptor (n)** योजक.

add (v) संख्या वाडोवप; बेरीज करप; जोडप; • **addition (n)** बेरीज; मेळणी; वाड; • **addendum (n)** पुरवणी; जोडणी; परिशिश्ट; अनुबंध; • **additional (adj)** अतिरिक्त; अदिकतराचो; खेरीत.

adder (n) एक ल्हान विखाळें जिवाणें.

addict (n) वायट वीद लागिल्लो; व्यसनी; घुंवळे वखदां बी घेवपी; चॅट लागिल्लो; • **addiction (n)** वीद; व्यसन; नाद; चॅट; आसक्ती.

addle (v) कुसोवंक दिवप; • **addled egg (n)** इबाडलेलें तांतीं.

address (n) नामो; पत्तो; ठिकाण; □ उपचारीक भाशण; • **addressee (n)** जिका चीट वा वस्त धाडटात ती व्यक्ती वा संस्था.

adduce (v) गवाय दिवप; पुरावो सादर करप; जें सांगलां तें आधारासयत मांडप.

adept (adj) फिशाल; पटायत; निपूण.

adequate (adj) फावो तितलो; पावसारको; पुरोसो.

adhere (v) (तत्वाक, मताक) घट दसून रावप; मत बदलनासतना रावप; भावार्थ दवरप; निश्ठा ओंपप; • **adherent (n)** निश्ठावान भक्त; • **(adj)** अभिमानी; पक्षाभिमानी; लग्नीकं.

adhesive (n) वस्तू दसोवपी जिनस; गोम; खळ; घुरूत.

ad hoc (adv) खाशेल्या वावरापासत (केल्ली तजवीज); तत्पुरत्या कामाखातीर (केल्ली मांडणी); तदर्थ.

adieu (int) बरें तर, येतां! येतां तर! **(n)** निरोप.

adjacent (adj) लागींचो; म्हऱ्यांतलो; जांची शीम एक असो.

adjective (n) विशेशण; नामाचो गूण दाखोवपी उतर.

adjoin (v) तेंकून आसप; लागून आसप. • **adjoint (adj)** लागून आशिल्लो; संलग्न.

adjourn (v) तत्पुरतो बंद दवरप; मुखार करूंक दवरप; • **adjournment (n)** तहकुबी; स्थगन.

adjudicate (v) न्यायालयामार्फतीन प्रस्न मिटोवप, सोडोवप; □ सर्तीत परिक्षक जावप.

adjunct (n)अडेक जोडिल्ली वस्त; □ हातासकयलो पालवी वावुरपी.

adjure (v) गळवज्ञा येवन मागप; □ सोपूत घालून करूंक लावप.

adjust (v) जाग्यार घालप; जुळोवप; जुळोवन घेवप; □ दुरुस्त करतना मातशें बदलून सारकें करप; □ समजिकायेन देणें-घेणें थारावप; • **adjustment (n)** जुळोवणी.

administer (v) वेव्हार चलोवप; व्यवस्थापन चलोवप; प्रशासन चलोवप; कारभार सांबाळप; (सोपूत) वदोवन घेवप; □ (नीत) करप. • **administration (n)** कारभार; प्रशासन; कारभारी मंडळ; प्रशासकी मंडळ; सरकार; □**administrator (n)** कारभारी; प्रशासक.

admiral (n) नौसेनेचो सगल्यांत वरिश्ठ अधिकारी; नौसेनाधिपती.

admire (v) ओखेवप; तोखेवप; थुळेवप; □ अजापान आनी आदरान पळोवप; •**admirable (adj)** तोखणाय करिसारको; बेस बरो; मान फावता असो; • **admiration (n)** तोखणाय; कौतूक; नवल; आदर; अजाप.

admit (v) प्रवेश दिवप; भितर घेवप; भरती करप; □ केल्ली चूक वा गुन्याव मानून घेवप; • **admissible (adj)**

ग्राह्य; मान्य करिसारको; • **admission (n)** प्रवेश; प्रवेश फी; □ कबुली; गुन्याव, चूक केल्लेविशीं मान्यताय.

admonish (v) शिटकावप; बऱ्याचीं दोन उतरां सांगप; चुकता म्हणपाची चत्राय दिवप; तापोवन काडप.

ado (n) घोसोळ; बोवाळ; धांवांधांव.

adobe (n) वतांत भाजिल्ली वीट.

adolescent (adj) (चलो वा चली) पिरायेन तेरा तीं एकुणीस भितरलीं; • **adolescence (n)** कुमारावस्था; किशोरावस्था; पौगंडावस्था.

adopt (v) पत्कर घेवप; आपलो म्हण पत्करप; □ (नियाळ, वाको बी) मानून घेवप; • **adoption (n)** पत्कर; आपलें म्हण मानून घेवप (ल्हान भुरग्याक); दत्तविधान; □ संस्थेच्या रिपोर्टाक मान्यताय दिवप.

adore (v) माया-मोग करप; • **adorable (adj)** माया-मोग करिसारको; मान, आदर दिवपासारको; खूब बरो; • **adoration (n)** आदराची, मोगाची भावना.

adorn (v) सजोवप; नेटोवप; शृंगारप; सोबाय वाडोवप. • **adornment (n)** साज; नेटोवणी; सजगवणी.

adrift (adj) येऱ्याबगर उफेतें (तारू); बांद नाशिल्ल्यान व्हांवतो; □ वाळेस (व्यक्ती).

adroit (adj) हुशार; कुशळ; फिशाल; चलाख; हजरजबाबी.

adulate (v) आपलें सादोवन घेवपाखातीर दुसऱ्याक चण्या झाडार चडोवप; दुसऱ्याचे फाटीफुडें नाचप; हय सायबा हय सायबा करप; कामापुरतो मामा म्हणप.

adult (n) वाडिल्ली व्यक्ती; समज आयिल्ली व्यक्ती; □ कायद्याचे नदरेन जाणटी व्यक्ती; प्रौढ; •**adult education (n)** प्रौढ शिक्षण; जाणट्यांचें शिकप; • **adult franchise, adult suffrage (n)** प्रौढ मताधिकार.

adulterate (v) (विकपाखातीर) बऱ्या जिनसांत उणाक जिनस भरसप; • **adulteration (n)** (फायद्याखातीर केल्ली) भरसण; भेसळ.

adultery (n) व्यभिचार; लग्न जाल्ल्या दादल्याचो वा बायलेचो दुसऱ्याकडेन अनैतीक संबंद.

adumbrate (v) नकसो बी काडून दाखोवन अंधूकशी कल्पना दिवप.

ad-valorem (adv & adj) मोलाप्रमाण; जसो दर तसो (कर).

advance (v) फुडें सरप; □ आंगार येवप; □ लक्षांत भरचें म्हण मागणें मुखार माडप; □ सुधारप; □ एकादऱ्या कामापासत पयली पयशे भरप; (थारायल्ली तारीख) आयल्यान हाडप; • **(n)** आगाऊ रक्कम; □ सुधारणा; उदरगत; □ मुखार सरणें; • **advanced (adj)** मुखार पाविल्लो; सुधारलेलो; प्रगत; नवी (येवजण); (पिरायेन) उतार.

advantage (n) आदाव; फायदो; लाव; बरतेपण; • **advantageous (adj)** फायद्याचो (प्रस्ताव).

advent (n) येवप, अवतार घेवप; □ क्रिस्ताचें येणें.

adventitious (adj) निजाचो न्हय असो; अडेचो.

adventure (n) धाडसाचें काम; पराक्रमाचें काम; संकश्टाक फुडो करपाचें काम; संकश्ट; जोखीम; • **(v)** जोखीम घेवप; संकश्टाक फुडो करप; साहस करप; •**adventurer (n)** धाडस करपी मनीस; □ परदेसांतल्यान भाड्याक हाडिल्लो सांगणेचो

शिपाय; □ आडकां-नाडकां करून जियेवपी; बिलंडर.

adverb (n) क्रियाविशेशण.

adverse (adj) हिताक बादा करपी; आड येवपी (दुर्भाग्य); विरोधी दिशेन येवपी (वारें); • **adversary (n)** दुस्मान; विरोधक; • **adversity (n)** वायट दीस; दुर्भाग्य.

advertence (n) लक्ष; ध्यान; चिंतन.

advertise (v) जायरात दिवप वा करप; जायरात करून लोकाक कळोवप; • **advertisement (n)** जायरात (म्हालाची बी); विज्ञापन.

advise (v) बुद्द वा मत दिवप; उपदेस करप; सल्लो दिवप; • **adviser (n)** सल्लागार; बुद्द दिवपी; • **advice (n)** बुद्द; सल्लो; मार्गदर्शन; • **advisable (adj)** करीसारकें; फावोशें; शाणपणाचें.

advocate (n) मान्यतायप्राप्त वकील; □ **(v)** अशिलाची बाजू (न्यायालयांत बी) मांडप; □ समर्थन करप; • **advocacy (n)** वकिली; फाटपुरवण.

adze (n) मदेर सुळसुळीत करपाची तासणी.

aegis (n) राखण दिवपी धाल; आलाशिरो; □ राखण.

aerate (v) वारें वा फूक घालप; □ उदकांत गॅस घालप; **aerated water (n)** सोद बी; जातूंत वायू (गॅस) आसा अशें उदक.

aerial (adj) अंतराळी, हवाई (नियाळ); • **(n)** (घो) एरियल; वाऱ्या-ल्हारांतल्यान संदेश घेवपी सरी (रेडियो, टीवीची बी).

aero (prefix) अंतराळासंबंदीत • **aerobatics (n)** हवाई कसरत; विमान चलोवपाचें कसब; • **aerodrome (n)** विमानतळ; • **aerogram (n)** विमानांतल्यान धाडपाची चीट (ही अंतर्देशी पत्राभाशेनूच आसता.) • **aeronaut (n)** अंतराळयान चलोवपी; • **aeroplane (n)** विमान; अंतराळयान; • **aerospace (n)** वायूमंडळ; अंतराळ; • **aeronautics (n)** विमानविद्या.

aesthetic (adj) सौंदर्याचो आस्वाद घेवपासंबंदीत; रसिकतायेसंबंदीत; कलेसंबंदीत; • **aesthetics (n)** कलेंतली सुंदरताय आनी सैमाची सोबाय हांचेविशींचें शास्त्र; सौंदर्यशास्त्र.

afar (adv) अंतराचेर; पयस.

affable (adj) गोड सभावाचो; जाचे लागीं वचूं येता असो; मोगाळ; इश्ट कसो लागींचो.

affair (n) व्यापार उद्देगाची गजाल; घडणूक; □ मोगासंबंदीत भानगड; लफडें.

affect (v) परिणाम करप वा जावप (हवेन वा हवेचो बी); बादा करप; बादिकार जावप; □ (वायट खबर आयकून) कळवळून वचप; □ आव हाडप; • **affected (adj)** जाका बादा जाल्या असो; दुशीत; वसो लागला असो; आव हाडपी; फोन्नां करपी; • **affectation (n)** हाडिल्लो आव; देखावो (करप).

affection (n) मोग; अपुरबाय; मोयपास; लकतुबाय; आपलेपण; □ (पिडेची) बादा; • **affectionate (adj)** मोगाळ; मायेस्त; मोयपाशी.

affiance (n) लग्नाचें उतर; साखरपुडो; □ विस्वास; भावार्थ; प्रतिज्ञा; • **(v)** लग्न थरावप.

affidavit (n) जबानीपत्र (हें सरकारी अधिकाऱ्यामुखार खाशेल्या कागदार बरोवन दिवचें पडटा); सोपूतपत्र; प्रतिज्ञापत्र; सोपुताचेर आधारलेलें बरप.

affiliate (v) नातें जोडप; संबंद आसप; (एकादरी कॉलेज एकादरे युनिवर्सिटीकडेन

जोडिल्ली आसप); □ पत्कर घेवप; • **affiliation (n)** संबंद; पुत्रनात्याचें बंधन. **affinity (n)** पंगडाचें पंगडाकडेन नातें; लागसारपण; □ आप्रभाव; आपलेपण; ओड; लागींचे संबंद; सोयरीक; □ अगत्य. **affirm (v)** खातरी दिवप; खंयेपण दिवप; हेंच बगेबर अशें अगत्यान सांगप; हयकारप; सांगणें उखलून धरप; □ म्होर मारप; • **affirmation (n)** हयकार; प्रतिज्ञा; • **affirmative (adj)** हयकारी. **affix (v)** (तिकट) लावप, चिकटावप; दसोवप; जोडप; बादप; **(n)** उतराचे आदीं वा अखेरेक अक्षरांची जोडणी; प्रत्यय. **afflict (v)** पिडा दिवप; कश्टावप; □ **affliction (n)** पिडा; कश्ट; दुख; त्रास; व्यथा. **affluent (adj)** गिरेस्त; श्रीमंत; आस्तिक; जाचें घर भरून दार ओतता असो; • **(n)** नदेक मेळपी व्हाळ; • **affluence (n)** गिरेस्तकाय; सुकाळ; खातड. **afford (v)** (वेळ वा दुडु वी) दिवक तांकप; शक्य जावप; पेलूंक जावप. **afforest (v)** रानां लावप; रानाची झाडां लावप; रानां तयार करप. **affray (n)** झगडे; कलकलाट; उचांबळाथ. **affront (v)** चार चौगात दुसऱ्याच्या आगार वचप; दुसऱ्याचो अपमान करप; इज्जत काडप; • **(n)** मुजरत केल्लो अपमान. **aflame (adv)** जळटे, पेटिल्ले अवस्थेंत; उज्यालोळांत. **afloat (adv)** उफेते अवस्थेंत; बोटींत, विमानांत बी; • **(adj)** चारकडेन पातळपी (खबर); रिणामेकळो; अडचणी मेकळो; □ चलनांत आशिल्लो; चालू. **afoot (adv)** पांयार; चलते अवस्थेंत; □ (कितें पूण वायट) करपाचें चल्लां अशें अवस्थेंत.

afraid (adj) भियेल्लो; भयाभीत जाल्लो; भयान कांचवेला असो. **afresh (adv)** नव्यान; परतून एक फावट; सुर्वेकसावन. **after (adv)** फाटल्यान; उपरांत; □ **(prep)** संबंदान; प्रमाण; धरून. **aftercare (n)** वैजूकी उपायांउपरांत पिडेस्ताची काळिज्जी उस्तवारी आनी घेतिल्ली जतनाय; (पिडेस्ताचो) उपायांउपरांतचो सांबाळ. **afternoon (n)** दनपार आनी सांजवेळ हांचेमदलो काळ. **afterthought (n)** (जे वेवजप पयलीं करूक फावतालें तें) घडणे उपरात करप; जाचो फायदो वा अशें उमगं केल्लें वेवजप; कळावान केल्लो विचार. **afterwards (adv)** उपरांत; मागीर. **again (adv)** परतून; दुसरे फावट; आनीक एके खेपे; • **again and again (adv)** वगर वगर; परत परत; निस्स निस्सं. **against (prep)** (ताचे) आड; (हाचे) उरफाटें; (एकादऱ्याचे) विरोधांत. **agape (adv)** अजापान चकामूर; आं केल्ले अवस्थेत; • **(adj)** धटाकलेल्लो. **age (n)** पिराय; वय; □ आयुश्य; आवक; □ काळ; यूग. • **aged (adj)** उतार पिरायेचो; म्हातारो; जाणटो; □ (फकाणांनी) जड्डो; • **middle aged (adj)** आडसाटो. **agency (n)** एकादें काम तडांक व्हरपाचें साधन; □ व्यापारी दलाली; म्हाल वितरावपाचो अधिकार; □ व्यापारी सेवा; सेवा दिवपी संस्था. **agenda (n)** बसकेची वा सभेची कार्यावळ. **agent (n)** दलाल; गुमास्तो; व्यापारी प्रतिनिधी; □ मदेस्त; रायबारी.

aggravate (v) (पिडा) बळप; जडावप; अदीक वायट जावप; □ (परिस्थिती) चड इबाडप; □ त्रास दिवप; □ राग हाडप.

aggregate (adj) एकांदर; सगळे; • **(n)** समुदाय; रास; पुंजो; • **(v)** एकठावप; पुंजावप.

aggression (n) घुरी; आक्रमण; धाड; जुलूम; • **aggressive (adj)** आंगार-पडो; जुलूम जबरदस्ती करपी; घुरी घालपी; झगडाळ; तीड काडपी; • **aggressor (n)** झुजाक सुरवात करपी; आक्रमण करपी.

aggrieved (adj) गांजिल्लो; पिडेस्त; जाचेर अन्याय जाला असो; दुखी बादल्या असो; तक्रार करपाक जाका कारण आसा असो.

aghast (adj) तटास जाल्लो; थटाकलेलो.

agile (adj) चपळ; सुडसुडीत; तुरतुरीत चलपी; आंगसूट; • **agility (n)** सुडसुडाय; चपळाय.

agist (v) भाडें फारीक करून गोरवां चरवाक लावप; □ गोरवां चरपाक भूंय भाड्यान दिवप.

agitate (v) उचांबळप; उचांबळावप; (लोकांक) खुबळावन घालप; हुसकावप; चळवळ करप; • **agitation (n)** चळवळ; आंदोलन; उचांबळाय; • **agitator (n)** चळवळो; चळवळ करपी; □ रवी (ताकाची).

aglet (n) वस्त म्हण छातयेकडेन लायतात ती पीन.

aglow (adj & adv) चकचकीत; झगझगीत; □ उचांबळीत.

agnail (n) कोर; नाक्षी; नाखटामुळाकडेन सुटिल्ली कात; हिका लागून बादता ती दूख.

agnostic (adj) अज्ञेयवादी; देव अज्ञात अशें मानपी; इंद्रियां अणभवतात तें सोडून हेर सगलें मनशाचे समजणेपेलें मानपी; • **agnosticism (n)** अज्ञेयवाद.

ago (adv) आदीं; आदल्या काळार.

agog (adj & adv) उत्सूक; उचांबळीत.

agony (n) फुगारमार; तळमळे; वळवळे; यातना; आटेविटे; • **agonizing (adj)** यातना दिवपी; वळवळावपी.

agrarian (adj) शेतकामतासंबंदीत; कसता ते भुंयेसंबंदीत.

agree (v) मत जुळप; मान्य जावप; हयकार दिवप; • **agreeable (adj)** मान्य जाल्लें; संतोस दिवपी; हिताचें; • **agreement (n)** करार; कबलात; आपसांत एकमत; संमतीपत्र.

agriculture (n) शेतकामत; भूंयकसणी; कृषी; • **agriculturist (n)** शेतकामती.

agronomy (n) भुंयेपासून पिकावळ काडपासंबंदींचें शास्त्र.

aground (adv) (तारूं) तडीक (मुंगरलेलें); □ जमनींत (गेल्लो).

ague (n) कुलकुल्याचो जोर; मलेरिया; □ कुलकुलो; कुडकुडो; • **aguish (adj)** जोरान कुडकुडपी.

ahead (adv) मुखार, फुडें.

aid (n) आधार; पालव; मजत; हातभार; हातभार लावपी मनीस; आधार दिवपी वस्त; • **(v)** आधार दिवप; मजत करप; • **aided school (n)** अनुदानप्राप्त विद्यालय.

AIDS (n)(घो) एड्स; Acquired Immune Deficiency Syndrome चो संक्षेप.

ail (v)बरो ना जावप; भलायकी इबाडिल्ली आसप; • **ailment (n)** अनारोग्य; पिडा; व्याधी; दुयेंस.

aim (v) हावेस बाळगप; उद्देश दवरप;

• तीर धरप; मोखप; नदर दवरप; • (n)हावेस; उद्देश; मोख; • aimless (adj) मोख, हावेस, ध्येय बी नाशिल्लो; जाका खेरीत अशें कितेंय करचें अशें दिसना असो; □ आलमपेड्डेर.

air (n) अंतराळ; जमनी ऊंचलो भाग; मळब; □ वायू; हवा; वारें; □ आव; सया; • (v) (मत, विचार) परगटावप; □ वाऱ्यार (सुकूक) घालप; on the air आकाशवाणीचेर वा दूरदर्शनाचेर.

aircraft (n) विमान; अंतराळयान.

airfield (n) विमानतळ.

air force (n) वायूसेना.

airless (adj) हवा वा वारें नाशिल्लो; घुसमटायणो; दमटेचें (वातावरण).

air-mail (n) विमानान हाड-व्हर करतात तें टपाल.

airport (n) विमानतळ.

air raid (n) विमान हल्लो.

airstrip (n) विमानतळावयली धांवपट्टी.

airway (n) विमानाची नित्याची वाट; □ खणींनी हवा घोळूक दवरलेली वाट.

airy (adj) (सुवात) झणझणीत वाऱ्याची; घोळटे हवेची; विसकळ; उमेद दिवपी.

aisle (n) (इगर्जेत, थिएटरांत बी) दोशीवटेन मांडिल्ल्या बसकामदली वाट; □ (देवळांत) सरवळी.

ajar (adv) दार वा जनेल अर्दें उकतें; मातशें उकतें.

akimbo (adv) कमरार हात दवरून उबो.

akin (adj) एकाच वर्गणांतलो; नातेवर्गियांतलो; सभावगुणान सारको; • (n) नातेवर्गी.

á la carte (adj) जेवण, वळेरेंतल्या एकेका जिनसाप्रमाण दिवपाचें (थाळयेभाशेन एकठांय न्हय).

alacrity (n) सुडसुडाय; सुडसुडीतपण.

á la mode (adj) नवे फॅशनीप्रमाण, नवे मोदीप्रमाण करपाचे.

alarm (n) गजर; घणघण; इशारत; □ भयाची भावना. • (v) संकश्टाची कल्पना, इशारत दिवप; शिटकावप; □ भेश्टावप; • alarmist (n) वायट किते घडपाचें आसा अशें सदांच सांगत भोंवपी.

alarm clock (n) गजराची घडयाळ.

alas (int) कटाकटा! आरेरे!

alb (n) मिसाचें धवें वस्त्र.

albert (n) कमराच्या वा बोल्साच्या घडयाळीची सरपळी.

albino (n) उजळ्ळेली व्यक्ती.

album (n) (घो) आल्बम; फोटो, चित्रां, पोस्टाच्यो तिकटी लावपाची पटी; संग्रहपटी.

albumen (n) तातयांतलो धवो बोळ.

alchemy (n) किमया; मध्ययुगीन रसायणशास्त्र (उणाक धातूचे भांगर करप बी).

alcohol (n) मद्यार्क; मद्यसार; • alcoholic (adj) सोऱ्याच्या वेसनांत घुसपल्लो.

alcove (n) वणटींतली आरमार; कत्रेल; □ आडसाची सुवात.

ale (n) सवादाचें कोडू पूण बीयरीपरस वेगळें पिवन.

alert (adj) जागरूक; सादूर; शिटूक; • (v) जागोवप; सादूर करप, शिटकावप.

al fresco (adj) (जेवण) उकत्यार घेवपाचें; मेकळे हवेंतलें.

algebra (n) बीजगणीत.

alias (adv) उर्फ; दुसऱ्या नांवान; □ (n) व्यक्तीचें दुसरें नांव (दवरलेलें आसल्यार).

alibi (n) गुन्याव घडला तेन्ना आपूण

दुसरेकडेन आशिल्लों अशें (जाचेर आरोप आसा तातें) सांगणें; अन्यत्र उपस्थिती.

alien (adj)(व्यक्ती वा वस्त) तिरायत; आपली न्हय अशी; अनवळखी; परकी; भायल्या गांवची; • **alienate (v)** दुस्मानकाय जोडप; दुस्मान करप; पयसावप.

alight (v) वाहनांतल्यान देंवप; □ मळबांत उडट्या शेवण्यान खाला येवन भुंयेर, झाडार बी बसप; • **(adj)** पेटिल्लो.

alignment (n) आंखणी (मार्गाची बी).

alike (adj & adv) समा; सारको; तसोच.

aliment (n) नित्याचें जेवणखाण; • **alimentary canal (n)** आहारनळी.

alimony (n) सोडचीट दिल्ले बायलेक कायद्याप्रमाण दिवचेली पोटगी.

aliquant (n) संख्या जिणें भागाकारांत भागले उपरांत बाकी उरता.

aliquot (n) संख्या जिणें भागाकारांत भागले उपरांत बाकी उरना.

alive (adj) जिवो; जागतो; वावरधंद्यांत गुल्ल.

alkali (n) एक क्षार.

all (adj) सगलो; सगलें; समस्त; सगट; अखिल; • **(n)** सर्वस्व; सगलें.

Allah (n) अल्ला; देव ह्या अर्थाचें अरबी उतर.

allay (v) थातारप; शांत करप; (उचांबळाय) उणी करप; (भंय) उणो करप.

allege (v) पुरावो दिनासतना आळ घालप, आरोप दवरप; • **allegation (n)** आळ; किचांट.

allegiance (n) निश्ठा; भक्ती; □ नातें.

allegory (n) रुपक; दृश्टांत; काणयेच्या रुपान देख दिवप.

allergy (n) (घो) ॲलर्जी; एकादऱ्या जिनसापासून कुडीक जावपी त्रास; □ एकादेर व्यक्तीविशीं नसाय; तिरस्कार; दोळ्यांमुखार नाका अशी भावना.

alleviate (v) (ताण) उणो करप; बुजवण दिवप; थंडावप; शांत करप.

alley (n) इमारतींमदली अशीर पायण; पांयवाट.

alliance (n) युती; संदान; राष्ट्रांमजगतीं इश्टागतीची कबलात; □ लग्नसंबंद, • **allied (adj)** संबंदीत; एकाच वर्गाचे; एकाच सभावगुणाचे; □ कबलातीन सांगात जोडिल्लीं (राष्ट्रां).

alligator (n) (अमेरिका आनी चीन देसांतलो) मानग्यासारको एक प्राणी; □ कितेंय घट्ट धरपाचें दांत आशिल्लें एक आवृत वा यंत्र; पक्कड.

alliteration (n) एका वाक्यांत एकाच अक्षरान सुरू जाल्लीं उतरां.

allocate (v) खाशेल्या कामाखातीर (पयशे बी) वेगळे काडप वा राखून दवरप; □ (जागो) वांटून दिवप.

allopathy (n) (घो) ॲलॉपाथी (हे तरेच्या उपायांत पिडेचें कारण कडसरावन वेगळें तत्व उपकरायतात.)

allot (v) (जागो बी) लोती घालून एकेकल्याक दिवप; • **allotment (n)** वांटिल्लो दुडू वा वांटो; वांटणी; □ कसपाखातीर दिल्लो जमनीचो कुडको वा कुणगी.

allow (v) मान्यताय दिवप; कुशीक काडप; मानून घेवप; हिसपाक घेवप; उणेअदीक धरप; • **allowance (n)** थारायिल्ल्या दुडवांची वा शिदावाची नेमान वांटणी; □ खर्चापासत कडेक दवरलेले पयशे; कश्टांचे जोडीभायली अवांतर रक्कम; भत्तो; □ मान्यताय; □ सूट.

alloy (n) मिश्रधातू; • **(v)** धातू भरसप; भांगरांत तांबें भरसप.

all-pervading (adj) सर्वव्यापी; सगल्याक पसवल्लो.

all-purpose (adj) सगल्या कामांक उपेगी.

all-powerful (adj) सर्वशक्तीमान.

all-round (adj) सगल्या कामांत फिशाल; अश्टतासांचो (गड्डे).

allude (v) अप्रत्यक्ष उल्लेख करप; नांव घेनासतना लेखून उलोवप; • **allusion** (n) अप्रत्यक्ष उल्लेख.

allure (v) तायणेत घालप; ओढ लावप; मोयपासांत ओडप; फुसलावप; भुलोवप; • **allurement** (n) म्हांवा-बोट; हायस.

alluvial (adj) नद्येन वा हुवागन सोडिल्लो (कोस); • **alluvium** (n) हुवागन देगेर सोडिल्लो कोस, माती, कचप वी.

ally (v) संबंद जोडप; लग्नीक जावप; कबलात करप; • (n) झट-राश्ट्र

Alma Mater (n) जातूत शिक्षण घेतलें ते विद्यालय, महाविद्यालय वा विद्यापीठ.

almanac (n) (घो) आलमानाक; दिनदर्शिका; पंचांग.

Almighty, the (n) सर्वशक्तीमान देव.

almirah (n) आरमार; कपाट.

almond (n) विदेशी बदामाचें झाड; विदेशी बदाम.

almoner (n) एकादऱ्या घराव्या वा संस्थेमार्फतीन धर्मादाय करपी; • **almonry** (n) अन्नछत्र; जेवणावळ; दान दिवचेली सुवात.

almost (adv) अदीक करून; चड करून; लागीं-लागीं.

alms (n) गरिबांक दानधर्म; • **almshouse** (n) दानधर्म करची सुवात; जाणट्या गरिबांक रावपाची सुवात.

aloe (n) एक वखदी वनस्पत.

alone (adj) एकमुगें; एकोडो; • (adv) एकलोच; एकसुरयां; एकोडो.

along (adv) सांगातान; वांगडा; • (prep) (सगली वाट) भर; (फुटपाथा) वयल्यान.

aloof (adv) पयस; वेगळो; कुशीक; अलिप्त; • **aloofness** (n) अलिप्तताय; एकसुरपण.

aloud (adv) कडान; मोठ्यान; आयकूंक येवपाइतल्या नेटान.

alp (n) दोंगराचें तेमूक; चड दोंगर; पर्वत.

alpaca (n) अमेरिकेतलें आलपाका नांवाचें एक लहवेचें जनावर; आलपाकाचे लहवेपासून केल्लें लुगट.

alpha (n) ग्रीक वर्णमाळेंतलें पयलें अक्षर; □ पांवड्यान वा गुणान पयलो.

alpha and omega (n) आरंभ आनी शेवट.

alphabet (n) भास बरोचेली अक्षरमाळ; वर्णमाळ; • **alphabetical character** (n) लिपी; • **alphabetical index** (n) वर्णक्रमान वळेरी.

already (adv) पयलीं; पयलींच; आदीं; आतां; इतल्यान; केन्ना.

alright (adv) सगळे बरे (आसा).

Alsatian (n) सुण्यांची एक जात (घर राखूक हाका सांबाळटात. पोलिसूय हाचो उपेग करतात).

also (adv) (हांय) बी; (तो)वय; (तो) लेगीत; (ताचे) खेरीज.

altar (n) आल्तार; इगर्जेतली वेदी; माची; □ लग्नाची सवो; • **altarpiece** (n) देवारो; आल्ताराफाटल्यान लायिल्लें पांयजेल वा देखावो; वेदीचित्र.

alter (v) बदलप; • **alteration** (n) केल्लो बदल; फेरफार.

altercation (n) झगडें; तोंडी लटाफट.

alternate (adj) दर दुसरो (मदीं) एक सोडून; एका फाटल्यान दुसरो असो पाळयेन येवपी, घडपी; दोंतलो एकलो; • **alternative (n)** विकल्प; पर्याय; निवड; • **(adj)** दुसरो; पर्यायी; • **alternator (n)** पर्यायी वीज निर्मुपी यंत्र.

although (conj) जरी; जरीय; लेगीत; अशें जाल्यारूय.

altimeter (n) ऊंचाय सांगपी विमानांतलें उपकरण.

altitude (n) ऊंचाय (दोंगराची); विमान बी कितले वयल्यान वता ती ऊंचाय.

altogether (adv) सगले मेळून; सगलें धरून; एकवटान; सामको.

altruist (n) दुसऱ्यापासत झरपी व्यक्ती; • **altruism (n)** दुसऱ्याच्या बऱ्यापासत वावुरपाची वज; परोपकार; परहितवाद.

alum (n) फडकी; तुरटी.

aluminium (n) (घो) आलुमीन; रुप्या-रंगाचो, कळमेनाशिल्लो, वजनाक ल्हव असो धातू.

always (adv) सद्दां; सर्वकाळ; दर फावट; आडवादाविरयत; परतून-परतून.

amalgam (n) कसलेंय मिश्रण; भरस; मेळोवणी; □ पारज आनी दुसरे एके धातूचें मिश्रण. • **amalgamate (v)** भरसप; एकजीव करप; एकजीव जावप.

amanuensis (n) घाल्लें बरोवंक वा हातबरपांची तालीक काडूंक नेमिल्लो मनीस.

amass (v) (दुडू बी) खूब जमोवप; सांठो करप; एकठावप.

amateur (n) हौशी; शौकीन मनीस; नवखो पूण उमेदीक लागून कित्यांतूय वांटो घेवपी मनीस; जोडीपासत न्हय तर उमेद भागोवंक नाटकांत, खेळांत भाग घेवपी.

amaurosis (n) आंधळेपण.

amaze (v) थटाकप; चड अजापांत पडप वा घालप. • **amazement (n)** थटाकणी; चड अजाप.

amazon (n) वीरांगना; झुजपी बायलमनीस.

ambassador (n) राजदूत; राष्ट्राचो प्रतिनिधी म्हण भायल्या देशांत वावरूंक नेमिल्ली व्यक्ती.

amber (n) हळडुवसार रंग (हो वाहनांचे येरादारीपासत पाचवो आनी तांबडो हांचे मदीं आसता); घट्ट जाल्लो झाडाचो दीख जाचे मणी करतात; • **amber bead (n)** तनमणी.

ambidexter (n) दोनूय हातांचो सारक्याच कसबान उपेग करपी; सव्यसाची; □ तड्डकी; दुटप्पी; हाका तसो ताकाय शिंगां लावपी; भामटो.

ambience (n) वातावरण; भोंवतण; परिसर.

ambiguity (n) दुवार्थपण; मोघमपण; म्हळ्यार हय, म्हळ्यार न्हय; हय आनी न्हय; • **ambiguous (adj)** दुवार्थी; संदिग्ध; जाचें खरें ना असो.

ambit (n) वावराचो आवाठ; शीम.

ambition (n) हावेस; व्हड जावपाची, बरें कितें करपाची पोटतिडक; आंवडो; • **ambitious (adj)** व्हड हावेस बाळगुपी; म्हत्वाकांक्षी.

amble (v) मंद गतीन वचप; सवकास वचप.

ambrosia (n) अमृत; सासणाचें जिवीत दिवपी अन्न; चिरंजीवनीय; □ पक्वान्न.

ambulance (n) पिडेस्तांक हाडूंक व्हरूंक उपकरावचेली गाडी; रुग्णवाहिका.

ambush (n) आडसाक रावन अचकीत घाल्ली घुरी; घुरी घालपाखातीर लिपून रावचेलो आडस; वाटेर अचकीत घुरी घालपी व्यक्ती वा लोक; • **(v)** आडसाक लिपून

रावन अचकीत घुरी घालप वा घालपाचे तयारेंत रावप.

ameliorate (v) परिस्थितींत सुदरप करप; निवळावप.

amen (int & n) तशेंच जांव ! तथास्तु !

amenable (adj) सांगिल्लें आयकपी; समजून घेवपी; समजिकाय दाखोवपी; कायदे-नेमांक पाळो दिवपी.

amend (v) (कायदो नेम) दुरुस्त करप; सुधारप; निवळावप; • **amendment (n)** दुरुस्ती; सुधारणा; दुरुस्तेपासत सुचोवणी; • **to make amends (v)** दुमऱ्याक केल्लें लुसकान (पयशांनी बी) भरप.

amenity (amenities) (n) आनंद दिवपी, गरज भागोवपी वेवस्था; सुखसोय.

amethyst (n) एक मोलादीक खडो; याकुत (सोरो सोट्टूंक लावपी).

amiable (adj) इश्टागतीचो; मोगाळ सभावाचो; जायसो दिसपी.

amicable (adj) इश्टागतीचें (वातावरण).

amid, amidst (prep) मदेवर्ती सुवातेर; मदीं; मजगतीं.

amiss (adv) चुकीन; आड रितीन; रितीभायर.

amity (n) इश्टागत; दोस्ती; मेळ.

ammonia (n) एके तेरेचो वायू (हाचो बर्फ कांय्क बी उपेग करतात).

ammunition (n) फारपेटाक लागपी दारुगुळो; □ हुनहुनीत चर्चेखातीर केल्ली तयारी.

amnesia (n) विसराय; स्मृतिभ्रंश.

amnesty (n) बंद्याचे ह्यास्तेंत सरकारान दिल्ली सूट; ह्यास्तसूट.

amok (adv) खुनशी अवस्थेंत; हिंसा करपाचो झटको आयिल्ले अवस्थेंत.

amongst (prep) मदें; भितर; (तांचे) वांगडा.

amoral (adj) नितीभायरें; अनेतीक.

amorous (adj) मोग-पिसो; मोगाक संवकल्लो.

amorphous (adj) अवडदबड; आकारान कशाकसो.

amount (n) दुड्वांचो आंकडो; दुडू; □ एकांदर जमा; रास; • **amount to (v)** कुल्लीं जमा जावप; असो अर्थ जावप; परिणाम जावप; (इतलें, तितलें) आसप.

amour (n) प्रेम प्रकरण; गुपीत मोग; □ मोगाचें लफडें.

ampere (n) विजेची पुरवण मेजपी माप.

ampersand (n) 'आनी' ह्या अर्थाची & ही कुरू.

amphibious (adj) उदकांत तसोंच भुंयेर रावपी; **amphibian (n)** उदक आनी भूंय हातूंत रावपी प्राणी (बेडो बी); □ उदक वा जमनीवयल्यान उड्डाण घेवपी अंतराळयान.

amphitheatre (n) भोंवतणी पाज्ज कशो बसका आशिल्लें खेळांमळ वा उकतें थिएटर.

ample (adj) जायतो; चकचयाळ; विसकळ; पावसारको.

amplify (v) आवाज वाड करप, फांकारता असो करप; □ बरप विस्तारावप; भर घालून वाडोवप. • **amplifier (n)** आवाज वाडोवपी विजेचें उपकरण; कोरनो; वर्धक.

amputate (v) शस्त्रक्रिया करून कुडीचो इबाडिल्लो भाग, विसवो कातरप.

amulet (n) गळ्याक वा हाताक बी बांदतात तो देवस्पणी दोरो; वायटापासून राखण मेळची म्हण आंगार घाल्ली मंत्रभरीत वस्त; तावज.

amuse (v) मौजेन वेळ सारप; रंजवप;

• **amusement (n)** मौजमजा; मनोरंजन; वेळ मौजेन सारपाचें कितेंय.

anachronism (n) कार्यविपर्यास; इतिहासांत नोंद केल्ली चुकीची खबर; सांगल्या त्या काळाबदला दुसऱ्याच काळांत जाल्ली व्यक्ती, घडणूक बी; जें जावंक शकना तें जाल्ल्याचें चुकीन सांगप; फाटल्या काळांत खपताल्यो त्यो गजाली आज करपाची चूक करप.

anaemia (n) कुडीच्या रगतांत तांबड्या पेशींचो उणाव; कुडीर पडिल्ली धवपाण; पंडुरोग; रक्तक्षय.

anaesthesia, general (n) शस्त्रक्रियेआदली भेरावणी, शुद्धिहरण; गुंगी; • **anaesthesia, local (n)** संवेदनाहरण; • **anaesthetist (n)** शस्त्रक्रिया करचेआदीं पिडेस्ताक तपासून गुंगी दिवपी वैज.

anagram (n) एका उतरांतलीं अक्षरां वापरून दुसरें उतर करप. देख : (name : mean).

analects (n) साहित्यांतल्यान वेंचून काडिल्ले वांटे.

analgesia (n) दुखीची बादा जायनाशिल्ली वा दूख उणी करपी अवस्था; • **analgesic (adj)** दूख उणी करपी (वखद).

analogy (n) सारकाय; एकसारकेपण; □ सारकाय दाखोवंक केल्ली सर; अनुकरण; • **analogous (adj)** समधर्मी, एकसारके.

analyse (v) चिकित्साय करप; फोडणिशी करप; • **analysis (n)** चिकित्साय; फोडणिशी; विसकावणी; कसलेय वस्तूचे घटक दाखोवप; • **analytical (adj)** विश्लेषणात्मक; विसकावणी करपी.

anarchy (n) सरकारविरयत अवस्था; □ बेबंदशाय; चांचाळ; • **anarchism (n)** सरकाराची गरज ना, सरकाराक लागून चांचाळ जाल्या अशें मानपी तत्वज्ञान; • **anarchist (n)** सरकार म्हणटात तें नाका ह्या तत्वाचो पाखो घेवपी; □ चांचाळ घडोवन हाडपी.

anathema (n) देवाचें रागणें; मालदिसांव.

anatomy (n) प्राणी वा वनस्पत हांच्या कुडींचें शास्त्र; शरीरविज्ञान; □ कूड; • **anatomize (v)** प्राणी वा वनस्पत कातरून संशोधन करप.

ancestor (n) घराब्याचो पूर्वज; मूळपुरुस; जाणटेलो; • **ancestral (adj)** पूर्वजांचो; वडिलांचो; जाणट्यांकडल्यान आयिल्लो; • **ancestry (n)** कुळपरंपरा; पूर्वजपरंपरा.

anchor (n) तारवाचो नांगर; □ थिराय तशी थाकाय दिवपी गजाल; • **(v)** नांगर सोडप; तारूं एकेच सुवातेर थारावप; • **anchorman (n)** कार्यावळीची मांडावळ हाताळपी; सुत्रधार.

ancient (adj) पूर्वपुरातन; खूब आदल्या काळचें; खूब पोरणें.

ancillary (adj) पालवी; आधारी; □ दुय्यम; □ जो मुळावो न्हय असो; • **ancillary industry (n)** पालवी उद्योगधंदो.

android (n) यंत्र-मनीस.

anecdote (n) आयकीव गजाल; एकादऱ्या ल्हानशा प्रसंगाचें रसाळ वर्णन; (व्हड मनशांविशींच्यो आयकीव गजाली).

anemometer (n) वाऱ्याची गती आनी दिका हांची नोंद करपी यंत्र.

anew (adv) नव्यान; आनीक एक फावट; वेगळे तेरेन; परतून.

angel (n) देवदूत; परी (हिका पांखां आशिल्ल्या रुपांत दाखयतात); • **angelic (adj)** देवदुतांसंबंदीत; रुपान परी कशें;

गुणेस्त.

anger (n) तिडक; भिरभिरी; राग.

angina pectoris (n) काळजा-पिंडेच्या मनशाचो अचकीत जावपी घुसमटमार वा ताका भोगता ती दूख.

angle (n) कोन; कोनमो; □ नदर; दृश्टीकोन; □ गरी; सितारी; • **(v)** गरयेन नुस्तें धरप; गरयेक नुस्तें फाराचप; • **angler (n)** गरोवणी करपी मनीस.

anglicize (v) इंग्लीश मनीस जाल्लेबरी जियेवप; असो आव हाडप.

angry (adj) रागार जाल्लो; खुबळ्ळेलो; □ रागिश्ट; • **angry look (n)** करा.

anguish (n) दूख; व्यथा; कळा; यातना.

angular (adj) कोनशे वा कोन आशिल्लो; तोंकां आशिल्लो; □ हाडा वयर सरत्यांत असो; किडकिडीत.

animal (n) प्राणी; प्राण आशिल्लो जीव (पूण वनस्पत नय); मोनजात; □ असंस्कृत मनीस; जनावर कसो वागपी मनीस; • **wild animal (n)** रानसावद; • **animal husbandry (n)** गोरवा सांबाळपाचें शास्त्र; पशुसंवर्धन.

animalcule (n) सामको बारीक जीव; मिक्रोब.

animalism (n) मनीस म्हळ्यार एक जनावर अशें मानपी तत्वगिन्यान; • **animality (n)** जनावरांचो सबसार; जनावर कशी चलणूक; रानवटपण.

animate (adj) जीव आशिल्लो; जितो; चेतन; जातूत जीव घाला असो; उमेदी; • **(v)** जीव घालप; प्राण फुकप; जितो करप; □ उमेद दिवप; उत्साही करप; • **animation (n)** प्राणसंचार; उमेद; उत्साह; • **animation films (n)** चलत्या-बोलत्या चित्रांचीं फिल्मां.

animosity (n) वैर; तिरस्कार; वायटपण.

animus (n) दुस्मानकायेची भावना.

aniseed (n) बडिशेप.

ankle (n) पांयांची खींळ; पांय आनी पावल जोडपी सांदो; खुबो.

anklet (n) जनरी; पांयजण; वाळो.

annals (n) घडणुकांचीं वळीन टांचणां; वर्सांच्या घडणुकांची नोंद; • **annalist (n)** वर्सुक्यो घडणुको बरोवन दवरपी; इतिहासकार.

anneal (v) घटसाण हाडप; धातूक अदीक घट करूक उज्यात घालून त्रिवोवप.

annex (v) दुय्यम म्हण मूळ वस्तूक दुसरी वस्त जोडप, लावप; □ दुसऱ्याचो प्रदेश आपल्या प्रदेशांत आसपावन घेवप; • **(n)** पुरवणी; जोडणी; • **annexe (n)** वेगळें पूण मूळ घराक जोंडल्लें लहान घर; मूळ इमारतीक लागून बांदिल्ली लहान जोड-इमारत; • मूळ कागदपत्राक लायिल्ली जोडणी.

annihilate (v) नश्ट करप; समूळमुशीं ना करप; तातींतिलो ना करून उडोवप; खलास करप.

anniversary (n) वर्सदीस; वाडदीस; जल्मदीस; मरणदीस; वर्सावायट प्रसगाचो वर्सदीस.

Anno Domini (n) (संक्षेप AD) इसवी सन; क्रिस्तवर्स.

annotate (v) फोडणिशेचें टाचण लावप; टीप बरोवप; • **annotation (n)** फोडणिशी; टीप.

announce (v) जाहीर करप; भौसाक कळींत करप; कळोवणी परगटावप; वितरावप; पेरगांव घालप; • **announcement (n)** जाहीर कळोवणी; परगटावणी; वितरावणी; • **oral announcement (n)** दवणें; पेरगांव. • **announcer (n)** जाहीर करपी;

कळोवणी वितरावपी.

annoy (v) तिडावप; सतावप; बेजार करप; • **annoyance (n)** तिडक; रागाची भावना; बेजाराय.

annual (adj) वर्सावळीचो; वर्सुको; वार्षिक; □ वर्सुको अंक वा वर्सुकें पुस्तक; • **annually (adv)** दर वर्सा; वर्सान वर्स; वर्सावळीक; • **annuity (n)** वर्साचें उत्पन्न; वर्सासन; • वर्सपट्टें कळंतर दिवपी मुदल.

annul (v) बातील करप; नूल करप; रद्द करप; □ बेकायदेशीर थारावप; सोंपिल्ल्याचें जाहीर करप.

annular (adj) आटये आकाराचो; वाटकुळो; कांकण कसो.

annum (n) वर्स; • **per annum** वर्साक; दर वर्सा.

anodyne (adj) दूख निवारक; दूख ना वा उणी करपी; • **(n)** ॲनोडायन वखद.

anoint (v) आंगाक सुगंधी तेल चोळप, लावप, माखप; □ दूख काडूंक लेप काडप.

anomalous (adj) नेमांआड; विचित्र; विसंगत; रितीवेगळो; विकट; • **anomaly (n)** विचित्रपण; विसंगती; विकटाय. (पांखां नाशिल्लें शेवणें ही एक विसंगती).

anonymous (adj) नांव नाशिल्लो; निनांवी (पत्र बी); अज्ञात; कोणालो वा कोणाकडल्यान तें कळना असो; • **anonymity (n)** नांवाची गुपिताय; निर्नामकी; नांव लिपोवप.

another (adj) दुसरो; आनीक एक; वेगळो.

answer (n) उत्तर; जाप; जबाब; □ प्रस्नाची सोडणूक; □ प्रतिकार; • **(v)** उत्तर दिवप; • **answerable (adj)** बरे वायट करणेक जापसालदार.

ant (n) मूय; • **ant hill (n)** रोयण.

antacid (adj) पित्तहारक; वायनाशक (वखद).

antagonist (n) प्रतीपक्षी; विरोधक; □ दुस्मान; वैरी; • **antagonism (n)** विरोध; □ दुस्मानकाय; वैर; • **(v)** (दुसऱ्याक) दुस्मान करप; पयसावप.

antarctic (adj) दक्षीण ध्रूव प्रदेशाकडलो.

ante (prefix) 'पयलीं' ह्या अर्थाचो (उतराचे सुर्वेक लागपी) उपसर्ग.

antecede (v) थारायिल्ल्या वेळापयलीं येवप वा वचप; • **antecedent (adj)** (प्रसंग) फाटलो; मागशिलो; दुसरो घडचे पयलीं घडिल्लो; • **antecedents (n)** कूळ; गोत्र; वंश; □ पूर्वेतिहास.

antedate (v) कागदपत्राचेर चलते तारखेबदला फाटली तारीख घालप; थारायिल्ले तारखेआदीं घडप; बेगीन घडत अशें करप.

antelope (n) काळवीट; सांबर; मेरू; हरीण.

antemetic (n) ओंकाऱ्याचेर वखद.

ante meridiem (n) मद्यानरात आनी दनपार हांचेमदलो काळ; पूर्वान्ह; दनपारा आदलो काळ.

antemundane (adj) सृश्टीचे उत्पत्तेपयलींचो; संवसारा पयलींचो.

antenatal (adj) बांयटेराआदलो; बांयटेरासंबंदीत.

antenna (n) (घो) ॲण्टेना; वाऱ्या ल्हारांतल्यान रेडियो, टीवीखातीर संदेश घेवपी सरी; □ एकादऱ्या किड्याच्या तोंडाक लांब केंस आसतात तांतलो केंस.

antepenultimate (adj) उपांत्यपूर्व; निमाण्या-आदल्या पयलींचो.

anterior (adj) आदलो; पयलींचो;

पुर्विल्लो; □ फाटलो; मागाशिलो.

ante-room (n) घराच्या व्हडल्या सालाआयली कूड; (धो) पास्तीस.

anthem (n) स्तवन; तुस्तगीत; भक्तिगीत; • **national anthem (n)** राष्ट्रगीत; राष्ट्रगान.

anther (n) पराग-कोश.

anthology (n) साहित्यिकाच्या वा साहित्यिकांच्या वैचीक बरपांचो वळेंन संग्रह.

anthrax (n) गोरवांच्या गेतांक जाता तो रोग; काळपुळी; देंटपुळी.

anthropoid (adj) आंगलोटान मनीस कसो (वानरासारको प्राणी).

anthropology (n) मानवशास्त्र; • **anthropos (n)** मानव.

anti (prefix) आड, विरोधी ह्या अर्थाचो उलाचे सुर्वेक लागपी उपसर्ग.

anti-aircraft (adj) विमानवेधी; दुस्मानाच्या विमानाचे दिशेन सोडिल्लो.

antibiotic (n) (धो) अँटीबायोटीक; सुक्षीम-जंतूनाशक; प्रतिजिवी.

antics (n) खेलबागडी; तावल्यो-बावल्यो; लागो.

anticipate (v) अपेक्षप; घडचेपयलीं मुखार घड्टलें अर्शें धरप; • **anticipation (n)** अपेक्षा; प्रतिक्षा; आस्त; पूर्वज्ञान; आदीं केल्लो अदमास; • **anticipatory (adj)** अपेक्षा धरून केल्लो.

anticlockwise (adv) घड्याळीचे कांटे चलतात तांचे उरफाटे दिशेन.

antidote (n) विखाचेर उतारो, उपाय, वखद.

antimony (n) एक धातू; □ अंजन; काजळ; सुरमो.

antipathy (n) किळस.

antipodes (n) दुसरें पोंत; धर्तीर जंय आमी रावतात ते सुवातेचे विरुद्ध दुसऱ्या पोंतार आशिल्लो वाटार.

antiquary (n) पोरणावळीचो अभ्यासक, संग्राहक; पुरातन वस्तूंचो अभ्यास करपी आनी त्यो पुंजावपी; • **antique (n)** पोरणी अपरूप वस्त; • **antiquity (n)** पुर्विल्लो काळ; □ पूर्वपुरातन जाल्ल्यान मोलादीक थारिल्ली वस्त; • **antiquities (n)** पुरावशेष.

antiseptic (n) एकाद्ो घाय पुलेणां भरपापासून आडावपी वखद; रोगजंतूनाशक.

antisocial (adj) समाजविरोधी; समाजविद्वाटो; □ मनीसघाणो.

antithesis (n) सामकी उरफाटी अवस्था; प्रतीस्थिती; विरोधालंकार.

antler (n) मेरवाचें शींग; फाग्रू फुटिल्लें शींग; शींगाचो फाग्रू.

antonym (n) उरफाट्या अर्थांचें उतर; विपर्यास.

antrum (n) खांच; फुटाळ; □ पोखर; पोकळी.

anus (n) नाडी; गाण; भोंक.

anvil (n) धपटपट्टी; ऐरण; जिचेर धातू दवरून पेटटात ती पट्टी; बडावची फातर; • **on the anvil (adv)** पटाचेर; विचारांत घेतिल्ले अवस्थेंत.

anxiety (n) काच; चिता; हुसको; उतळताप; फुडारावशीं दुबाव, कलकल; धुगधुग; • **anxious (adj)** चिंतेस्त; हुसक्यांत पडिल्लो; अस्वस्थ; आकूळ-पिकूळ.

any (adj) कोणूय; खंयचोय; • **(pron)** कोणूय एक • **(adv)** मातूय; मातपूण.

anybody (pron) कोणूय; कोणाच्यानूय; खंयचोय.

anyhow (adv) कशेंय जाल्यार; कितेंय जाल्यार; कशेय भाशेन; कितेय करून;

□ कशाकशें; कशाकशेंय.

anything (pron) कसलेंय; कितेंय.

anyway (adv) कशेंय जावं; कितेंय जावं; कशेंय जायना....

anywhere (adv) खंयचेय सुवातेर; खंयच.

aorta (n) काळजाची महाधमणी; व्हडली शीर; महारोहिणी.

apace (adv) ताकतिकेन; सट करून; बेगीबेगीन.

apart (adv) एके वटेन; कुशीन; □ पयस; □ वेगळें; □ हें सोडून.

apartheid (n) वर्णभेद; रंगभेद; कातीच्या रंगाक लागून वेगळेचार मानप; वर्णतिरस्कार.

apartment (n) रावतिका वा कचेरी; □ दालन.

apathy (n) जडाय; निरित्सा; उदासीनताय; नाका दिसप.

ape (n) शेंपडी नाशिल्ली माकडाची एक जात; □ व्यक्ती केलदावणी, खेतबागडीं करपी; नक्कल करून रंजोवपी; □ **(v)** नक्कल करप; • **apish (adj)** माकडाभाशेन; मूर्ख.

aperient (n) कोठो-निवळायणें वखद; लॅंव भायरी.

aperitif (n) जेवचेपयलीं घेवचेलें भूक वाडोवपी पाचक.

aperture (n) मूख; छिद्र.

apex (n) सगल्यांत ऊंच सुवात; तेमूक; □ कळस; शिरोबिंदू; • **(adj)** माथ्यावयली; ऊंचेली.

aphid (n) वनस्पतीक लागपी एक कीड; पान-अूय.

aphorism (n) सूत्र; □ अर्थपूर्ण ल्हान वाक्य; सुभाषित; म्हण; ओपार.

apiary (n) म्होंवामूस पोसपाची सुवात; मधुवन; • **apiculture (n)** म्होंवामुसांची म्होंवाखातीर पोसवण; मूस पोसप.

apiece (adv) जण एकाक; दर एकाक.

aplomb (n) आत्मविस्वास; धिटाय; थाकाय; मनाची शांतताय.

apogee (n) माथ्यावयलें सामकें पयशिल्लें तोंक; ऊंचली सुवात; पृथ्वीभोंवतणी चंद्र घुंवतना चडांत चड पयस पावता तें तोंक.

apologize (v) चूक केल्लेपासत भगसणी मागप; माफी मागप; • **apology (n)** चुकीपासत, गुन्याव केल्लेपासत मागिल्ली भगसणी; माफी-मागणें.

apostasy (n) स्वधर्मत्याग; □ स्वपक्षत्याग; • **apostate (adj)** आपलो धर्म सोडपी; धर्मभश्ट.

apostle (n) जेजूच्या बारा शिश्यांतलो जण एक शिश्य; • **apostle (n)** धर्मपरिवर्तन घडोवन हाडपी क्रिस्ती धर्मोपदेशक; □ एकादरे क्रांतीकारी चळवळीचो सुर्वेचो वावुरपी; • **apostolate (n)** धर्मप्रचारकाचें कार्यालय.

apostrophe (n) बरपांतली ' ही कुरू (isn't) □ (ता)चो,ची,चें ह्या अर्थापासतूय ती वापरतात.

appal (v) कांपोवप; थरथरावप; भेश्टावप; • **appalling (adj)** आवरो उडोवपी; कांपेरें भरपी; भयांकृत.

apparatus (n) उपकरणां आनी यंत्रां; वैजांनी आनी विज्ञानिकांनी वापरपाचें साहित्य; □ यंत्रसामुग्री.

apparel (n) आंगावयलीं; तयार कपडे; भेस; मुस्तायकी.

apparent (adj) दोळ्यांक दिसपी; दिश्टीक पडपी; उगडापें; स्पश्ट; प्रत्यक्ष; □ वयलेचारायें; आभास कशें; • **apparently (adv)** स्पश्टपणान; वयलेचाराक; पळोवंक गेल्यार.

apparition (n) भूत बी दिशिल्ल्याचो

भास; □ दिव्य दर्शन.

appeal (n) आधाराचें, मजतीचें मागणें; □ उलो; □ आकर्षण; ओड; □ निर्णयापासत वरिष्ठांकडेन केल्लो अर्ज; • **(v)** अर्ज करप; मागणें करप; मजतीपासत उलो मारप.

appear (v) दोळ्याक वा मनाक दिसप; □ पटप; □ नेमाळ्यानी बी येवप; □ हाजीर जावप; • **appearance (n)** नुरा; रूप; □ सवंग; □ हाजिरी; □ दाखवण; □ आभास; भास.

appease (v) थंडावप; थातारप; पारासप; □ भूक, कींव वा रूच भागोवप; □ दुस्मानामुखार मान बागोवप; □ (झगडटल्या वा रडटल्या भुरग्याक) फुसलावप.

appellant (n) वरिष्ठ न्यायालयाकडेन अर्जी करपी; • **appellate court (n)** अपील आयकुपी वरिष्ठ न्यायालय.

appellation (n) नांव; बिरूद.

append (v) (टांचण बी) जोडप; पुरवणी लावप; • **appendage (n)** जोडणी; पुरवणी; परिशिष्ट; उपांग.

appendicitis (n) (घो) आपेंदिसी; आतकडेच्या कोंबाक आयिल्ली सूज.

appendix (n) आतकडेक आसता तो कोंब; □ परिशिष्ट; पुस्तकाचे अखेरेक दिल्लें पालवी बरप.

appertain (v) नात्याची संबंद आसप; कोणाचो तरी नात्यान लागप; □ कोणाचे तरी सुवादीन, शेकातळा आसप.

appetence (n) आवड; इत्सा; ओड; रूच; □ वानसा; □ लागिल्ली भूक.

appetite (n) खाणा-जेवणाची रूच; तान; भूक; □ वावराची आवड; □ वानसा; • **appetizer (n)** पाचक.

applaud (v) ताळयो पेटून, आडडून मान्यताय परगटावप; • **applause (n)** ताळयो पेटून केल्ली तुस्त, तोखणाय.

apple (n) सफरचंद; सफरचंदाचें झाड.

appliance (n) उपकरण; आवृत (घरच्या कामाचें बी).

apply (v) अर्ज करप; □ तेल, रंग, लेप लावप वा माखप; □ उपेगांत हाडप; □ लागप (हें ताका लागता); • **applicable (adj)** उपेगाचो; योग्यतायेचो; □ लागू; बसपी; • **applicant (n)** अर्जदार; अर्ज करपी; उमेदवार; □ मागपी; • **application (n)** अर्ज (नोकरेखातीर बी); आवेदन; • **applied (adj)** वेव्हारांत चलसारकी, उपेगांत येवपासारकी (कला, शास्त्र बी).

appoint (v) (वावरार, अधिकाराच्या जाग्यार) नेमप; नेमणूक करप; □ (दीस, थळ बी) थारावप; • **appointment (n)** नेमणूक; □ वेळ, थळाची थारावणी.

apportion (v) वाटणी करप; वांटून घेवप.

apposite (adj) जाय तशें; जिस्ताजिस्त; फावो तशें; (उतर) मुद्देर थीक कशें; • **apposition (n)** वस्त वा उतर तेकून लावप.

appraise (v) नियाळ घेवप; मोल थारावप; मोलावप; □ (सरकारात भरपाची) पटी थारावप. • **appraisal (n)** नियाळ; मेजमाप; मोलावणी.

appreciate (v) मोलादीकपण लक्षांत घेवप; गजाल बरी हाची समजिकाय आसप; कित्याक बरी तें खबर आसप; □ समजप (दुसऱ्याची अडचण); □ दर वाडप; • **appreciable (adj)** लक्षांत येवक पुरो असो; • **appreciation (n)** तोखणाय; कौतूक; □ रसग्रहण; बऱ्या गुणांची चर्चा; समजिकाय; □ दरवाड.

apprehend (v) (गुन्यावगार वा म्हाल) धरप; □ समजून घेवप; □ हुसको बाळगप;

• **apprehension (n)** धरपकड; □ बोध; समज; □ हुसको; • **apprehensive (adj)** भियेल्लो; कांचवेल्लो.

apprentice (n) नोकरेक लागचेपयलीं धंयच उमेदवार म्हण काम करपी; जाणकाराच्या हाताखाला कांय काळ थोड्या पगारार नोकरी करपी उमेदवार; शिकवण घेवपी उमेदवार कामगार.

apprise (v) कळोवप; म्हायती दिवप.

approach (v) कित्याचेय लागीं, म्हऱ्यांत पावप; लागीं येवप; • **(n)** पद्धत; रीत; □ मार्ग; वाट; • **approachable (adj)** लागींचो; वचूंक सोपो; कठीण न्हय असो; जाचेसरीं पावूंक जाता असो.

approbation (n) कौतूक; तोखणाय; □ मान्यताय; मंजुरी.

appropriate (adj) निजाचो; कामाक योग्य; फावोसो; • **(v)** आपणाक दवरप; आपणाखातीर मोडप; हातासप; • **appropriation (n)** थारायिल्ल्या कामाखातीर विनियोग; वापर; □ आपल्या उपेगाखातीर कडेक दवरलेलो दुडू; □ हातासणी.

approval (n) पसंती; मंजुरी; मान्यताय; • **approve (v)** पास करप; मंजुरी दिवप; □ योग्य, बरें आनी खरें मानप; • **approver (n)** भगसणी जोडिल्लो गुन्यावगार गवाय.

approximate (adj) उणोअदीक; लागींलागीं; सुमार; लागशिल्लो; सारकायेक लागता तसो.

appurtenances (n) वांगडा हाडिल्ली सामुग्री; पालवी वस्तू; उपांगां.

apricot (n) जरदाळू.

April (n) एप्रील; क्रिस्ती वर्साचो चवथो म्हयनो.

apron (n) (घो) एप्रन; आंगावयलें वस्त्र म्हेळचें न्हय म्हण वापरपाचें अदिकतराचें वस्त्र.

apropos (adv) उद्देशान; विशयाक धरून; विशयासंबंदान.

apt (adj) प्रसंगाक फावोसो; योग्य; □ शक्यताय आशिल्लो; □ सोपेपणान समजिकाय घेता असो; • **aptitude (n)** खेरीत काम करपाची निजाची तांक; योग्यताय; पात्रताय.

aqua (n) उदक; • **aquatic (adj)** उदकांत रावपी.

aqualung (n) पाणबुडे वापरतात तें स्वास-उस्वासाचें रुपडें.

aquarelle (n) जलरंगी चित्र.

aquarium (n) मत्स्यालय; नुसतें वा हेर उदकांतले प्राणी वा वनस्पत पोसपाची टांकी; तळी वा मांडावळीचें घर; • **aquatic (adj)** उदकांत जियेवपी आनी वाडपी (जीव वा वनस्पत).

Aquarius (n) कुंभ रास.

aquila (n) गरूड.

aquiline (adj) किराचे वा घोणीचे चोंचीभाशेन बाग आशिल्लें (नाक).

Arab (n) अरबी नागरीक; अरब; • **Arabic (n)** अरबी भास.

arable (adj) कसपाक, रोवंक बी फावोशी (भूंय).

Aramaic (n) आरमेईक भास.

arbiter (n) किजिलांत नीत करूंक नेमिल्ली व्यक्ती; • **arbitrator (n)** मदेस्त; किजील मिटोवंक मजत करपी व्यक्ती; • **arbitrate (v)** किजील मिटोवंक मदेस्ती करप; • **arbitration (n)** जांचे भितर किजील चलता तांणी मानून घेतिल्ल्या तिरायतामार्फतीन चलतली मदेस्ती; लवाद; • **arbitrary (adj)** नेमांक धरून नाशिल्लो; मनाक मारता तसो.

arbor (n) (घो) शाफ्ट; जिचेर यंत्राची

चाकी घुंवता ती दांडी.

arboraceous (adj) झाडाभाशेन; रुखावळीचो; • **arboriculture** (n) झाडांची रोवणी; रोपे-लावणी; • **arbour** (n) वाल्लींची सावळी दिवपी खोंप; □ बागेंतलो वाल्लीं-माटव.

arc (n) (घो) आर्क; कंसाकृती; अर्दचंद्राकृती.

arcade (n) आर्काआर्काचो मार्ग; दुकानांमदली पाश्ट आशिल्ली अशीर वाट.

arch (n) आर्क; घराच्या दागवयलो भार घेवपी आर्क; • (adj) मुखेल (दुस्मान); □ (गुन्याब करपांत) खाणो; तिजिल्लो; • **arch-enemy** (n) जल्मयुगाचो वैरी; मुखेल दुस्मान; • **archway** (n) आर्कापोंदची वाट.

archaeology (n) पोरणावळ शास्त्र; पुरातत्व विद्या; पूर्व-पुरातन वस्तू वा वास्तू सबदींचे शास्त्र; • **archaic** (adj) आदलो; पुर्विल्लो; पूर्वपुरातन; □ आयज चलना अशो.

archbishop (n) धारावीक प्रदेशाच्या क्रिस्तांवांचो धर्मगुरू; (घो) आर्चबिशप; • **archdiocese** (n) आर्चबिशपांच्या अधिकारांतलो वाटार.

archer (n) तिरकमटो चलोवपी; धनुश्य, धणू चलोवपी; तिरमागो; तिरदाज; धनुर्धर; • **archery** (n) धनुर्विद्या.

archetype (n) मूळ प्रत; अस्सल वस्त.

archipelago (n) जुंव्यां-पुंजो; □ जुंव्यांनी व्यापिल्लो दर्याचो वांटो.

architect (n) (घो) आर्किटेक्ट; वास्तूशिल्पकार; रचनाकार; • **architecture** (n) बांदावळ शास्त्र; वास्तूशिल्पशास्त्र; □ बांदावळीची ठेवण.

archives (n) (घो) आर्कायव्स; पोरणीं बरपां पुंजावपाची आनी सांबाळपाची साळ; दप्तरखानो; • **archivist** (n) दप्तरदार; पुरालेखपाल.

arctic (adj) उतर ध्रुव प्रदेशाकडलो.

ardent (adj) (पक्षाचो समर्थक बी) पोटतिडकेचो; उर्वेचंत; जळजळीत; • **ardour** (n) पोटतिडक; उर्बा; खतखतो.

arduous (adj) अवघड; कठीण; कश्टांचें; गटखळ; जड.

area (n) क्षेत्रफळ; गर्बी.

areca (n) माडी; फोफळ (झाड); • **areca grove** (n) कुळागर; • **areca nut** (n) फोफळ; बेडो; सुपारी.

arena (n) आंगण; आखाडो; वाटकुळें खेळागण; □ झुजामळ; □ वावराचो वाटार.

argent (adj) रुप्यावरी चकचकीत.

argil (n) आयदनां करपाची कुमारमाती; चिकणमाती.

argot (n) वर्गबोली; चोरांचे टोळयेची बी आपसांतली भास.

argue (v) तर्काच्या आधारान मांडप; चर्चा वा भासाभास करप; वाद करप; • **argument** (n) युक्तिवाद; चर्चेचो विशय; □ भासाभास; □ वाद; □ रुजवात; □ तर्कट.

argy-bargy (n) वितंडवाद; हट्टेक पेटून केल्लो वाद.

arid (adj) पडंग; तळपेल्लो; सडो कसो; रखरखीत.

Aries (n) मेष रास; □ एक नक्षत्र-पुंजो.

aright (adv) जाय तशें; योग्य अशें; □ ठाकठीक; सारकें.

arise (v) उठप; उदेवप; ऊंच येवप; उप्रासप; जल्माक येवप; परिणाम जावप; लक्षांत येवप.

aristocracy (n) बाब लोकांचें राज्य; प्रतिश्ठितांचें राज्य; उमरावशाय; • **aristocrat** (n) उमराव;

• **aristocratic (adj)** बाब; प्रतिश्ठीत.

arithmetic (n) अंकगणीत; आंकड्यां-गणीत; आंकड्यां-उपेग.

ark (n) आलाशिरो; सुगूर सुवात; पेट; तिजोरी; □ पाख्याची पातमारी.

arm (n) भुजासावन मनगटामेरेनचो हात; बावळो; □ रुखाची खांदी; □ कदेलाचो हात; □ (कायद्याचो) हात; □ तुबक; हत्यार; आर्म; • **(v)** शस्त्रसज्ज जावप, करप, रावप बी; शस्त्रां घेवन तयार जावप, करप, रावप बी.

armada (n) आरमार; नौदल; झुजां-तारवांचो तांडो.

armament (n) झुजाचें सायित्य; शस्त्रसामुग्री.

armature (n) (घो) आर्मेचर; डायनामो वा इलॅक्ट्रीक मोटरांतली विजे-तार रेवडायल्लो भाग; □ पुतळ्याचो भितल्लो सांगाडो.

armchair (n) सुशेग घेवपाची हातांची बसका; ओलतेर.

armed forces (n) सशस्त्र बळ (फौज).

armistice (n) युद्धविराम; तत्पुरती झूजबंदी; संधी; □ दुस्मानकायेचो शेवट.

armlet (n) हाताचो वाळो; कडें; कांकण; बाजूबंद; □ न्हंयचो फांटो.

armour (n) आंगत्राण; कट्टें; कवच; चिलखत; □ झुजाच्यो गाडयो.

armoury (n) तोफखानो; शस्त्रागार; झुजार्ची हत्यारां दवरपांची कोठी.

armpit (n) खांक.

army (n) सैन्य; फौज; लस्कर; □ लोकाचो मोटो जमो; आकांताची गर्दी.

aroma (n) परमळ; घमघम; वास; • **aromatic (adj)** परमळीत; घमघमीत; वासाळ.

around (adv) चोंयवशीन; भोंवतणीं; सगले वटेन; □ सुमार.

arouse (v) जागोवप; □ उचांबळावप; खुबळावप; □ जागप; उमेदीर येवप.

arrack (n) हुर्राक; ताडी.

arraign (v) न्यायालयांत आरोपपत्र दाखल करप; आरोप दवरप; फिर्याद करप; गुन्यावगाराक मनसुबदारामुखार उबो करप.

arrange (v) दाळप; निटायेर घालप; मांडप; वर्गावर्गी करप; □ वेवस्था करप; थारावप; • **arrangement (n)** बंदिस्ती; तयारी; तजवीज; मांडणी; मांडावळ; बंदोबस्त.

arrant (adj) सामको (मूर्ख बी).

arras (n) आरास; सोबायेपासत वणटीर सोडिल्ले नक्षीचे पड्डे वा मांडिल्ल्यो वस्तू.

array (v) (क्रमान, नीट, सजोवन) मांडप; □ न्हेसोवप; सजोवप; □ न्हेसप; सजप; □ सैन्याची झुजापासत मांडावळ करप; □ तयारी करप.

arrears (n) देणी वा येणी बाकी; □ करपाचो उरिल्लो वावर.

arrest (n) अटक; कैद; □ थांबणी; • **(v)** अटक करप; धरप; बंदी करप; □ आडावप; थांबोवप; □ लक्ष ओडप; • **arresting (adj)** धरपी, अटक करपी (अधिकारी); □ आकर्शक; ओडलायणो; भुलयणो.

arrival (n) येवप; पावप; आगमन; येणें; आवक; • **arrive (v)** येवप; पावप.

arrogance (n) घमेंड; जाणवाय; बडाय; मद; पात्रास; तुतनायक; खरमस्ती; • **arrogant (adj)** उर्मट; जाणवाय; घमेंडी; मदांध; • **arrogate (v)** दुसऱ्याचें हातासप; आपलें नासतना आपलें म्हणप; फटीचो दावो करप.

arrow (n) तीर; बाण.

arsenal (n) शस्त्रसामुग्रेची कोठी; शस्त्रागार; शस्त्रांचो कारखानो.

arsenic (n) सोमल; जंतूनाशक वा हुंदराचें वीख करूंक वापरपाचो पदार्थ.

arson (n) घरादाराक, इमारतींक बी मुजरत, मस्तेन लायिल्लो उजो; घरांदारां लासप.

art (n) कला; शिल्प; □ चलाखी; कसब; • **the arts** (n) वाङ्मय; साहित्य; □ विद्यापिठांतलो शिक्षणाचो एक विभाग (हातूंत विज्ञान येना); • **art criticism** (n) कलासमीक्षा.

artefact, artifact (n) हातानी केल्ली सोबीत वस्त; हस्तकागिरी; हाती वावर (चड करून मातयेचो वा लांकडी कोत्रावणेचो).

artel (n) कारागिरांचो एकवट; शिल्पकारांची संस्था.

artery (n) काळजातल्यान कुड़ीक शुद्ध रगताची पुरवण करपी शीर; गेंहिणी; □ फाटे आशिल्लो मुखेल मार्ग.

arthritis (n) सांद्यापिडा; सादेदुखी.

article (n) एकादी वस्त; जिनस; □ बरप; लेख; □ अनुच्छेद; कलम; □ उपपद; विगुणविशेशण; • **articles** (n) नेमावळ.

articulate (v) स्पश्ट आनी सुसगत उलोवप, उच्चारप; □ भाग जोडप; जोडून मेळ सादप.

artificial (adj) अडेंचें; कृत्रीम; □ फटींचें; बनावटी; नकली; • **artificial limb** (n) कृत्रीम अवयव.

artillery (n) तोफखानो; माळखानो; □ तोफो, माळी बी चलोवपी सैन्याचो विभाग.

artisan (n) कारागीर; हातांनी सोबीत वस्तू करपी.

artist (n) कलाकार (चित्रीक, शिल्पी वी); □ कळाशी वापरून काम करपी; आंगात कलागूण आशिल्लो; • **artiste** (n) वेवसायीक कलाकार; खासा करून माचयेवयलो कलाकार; • **artistic** (adj) बऱ्यो वस्तू करपासंबंदीत; सोबीत; सुंदर.

Aryan (n) आर्य वंशाचो.

asafoetida (n) हींग.

ascend (v) चडप; वयर वचप; उदगत करप; लोकीक जोडप; अधिकाग्पदार बसप; • **ascent** (n) चडटी, चडाव; वयर चडप; □ पांवडो; सपण; □ उदेव; • **ascension** (n) जेजू क्रिस्ताचें सर्गी चडप, वचप.

ascertain (v) सोदून काडप; खात्री करप.

ascetic (adj) तपस्वी; योगी; सन्याशी.

ascribe (v) जापमालदार धरप; □ श्रय दिवप; □ अमक्यानूच केलां म्हण लेखप.

aseptic (adj) पूं जावक नाशिल्लो.

ash (n) गोबर; भस्म; बिबुत; • **ashes** (n) मारी; अस्थी; लासलेउपात मेल्ले कुड़ींचे उरिल्ले अवशेश; □ क्रिकेट खेळांत जोडचेलो कांड.

ashamed (adj) वायट करणेंक लागून जाका लज जाल्या अशो; लज्जेक पडिल्लो.

ashore (adv) तडीक; देगेर; वेळेर.

ashram (n) आश्रम.

ash tray (n) (घो) ॲश ट्रे.

ashy (adj) कुड्डो; चिटको; गोबरो (रंगान); □ जीव नाशिल्लेवरी.

aside (adv) एके कुशीन; पेल्यान; कांडेक; पयस; असवडीं.

asinine (adj) गाढवाभाशेन; □ अबुद्धी.

ask (v) (प्रस्न) विचारप; निमाणप; विनंती करप; • **ask for** (v) मागप; □ आपोवप.

askance (adv) दुवावान; वायट नदरेन; आड नदरेन; □ कडेंतल्यान.

askew (adv & adj) तिरकस; तिरसो.

asleep (adj) निदिल्लो.

aslope (adv) देंवतो; पालसो.

asp (n) एक ल्हान विखारी जिवाणें.

aspect (n) देखावो; रुपकार; दशा; पक्ष.

asperity (n) सभावाची वा आवाजाची खरसाण, तिखसाण; जमनीची खडबडसाण.

aspersion (n) दुसऱ्याचेर घाल्लें बगलांट; दुसऱ्याच्या नांवाचेर उडयल्लो शिताडो; □ दुसऱ्याची बदनामी.

asphalt (n) डामर; बिरेव; खडी, रेंव आनी डामराची भरस.

asphyxia (n) स्वास-उस्वासाक आडखळ; घुसमटमार; घुसमटणी.

aspirant (n) उमेदवार; हावेस बाळगुपी; इत्सूक; • **aspire (v)** आंवडेवप; हावेस धरप; इत्सा बाळगप; फुडें सरपाची इत्सा धरप; • **aspiration (n)** हावेस; आंवडो; अत्रेक; □ स्वास घेवप.

aspirin (n) तकली उसळटा ताचेर एक वखद.

asquint (adv) कडेंतल्यान; तिरशे नदरेन.

ass (n) गाढव; □ अबुद्दी मनीस.

assailant (n) धपको हाणपी; हल्लो करपी; आंगार हात घालपी; • **assail (v)** हल्लो करप; धपको हाणप; दुखापत करप; □ भडिमार करप.

assassin (n) (नांवाजते) व्यक्तीचो खुनी; हत्या करपी; दुसऱ्याक जिवानशीं मारपी; • **assassinate (v)** खून करप; हत्या करप; • **assassination (n)** खून, हत्या.

assault (n) (घो) आताक; अचकीत केल्लो हल्लो; घाल्ली घुरी; धपको; • **(v)** हल्लो करप.

assay (v) भांगराचो, रुप्याचो कस तर्जप; पारखप; • **(n)** कसवटणी.

assemble (v) (वांटे, भाग, आंगां) एकठावप; घडोवप; एकठांय जोडप; □ एकठांय जमप; • **assembly (n)** सभा; मेळ; • **Assembly (n)** विधान सभा.

assent (n) मान्यताय; हयकार; मंजुरी; स्वीकृती.

assert (v) आपलें अस्तित्व दाखोवप; नेटान, विस्वासान सांगप; अधिकारान स्पश्ट मांडप; □ आपलो दावो लावप; • **assertion (n)** दावो, हक; □ प्रतिज्ञा; सोपूत; ठाम सांगणें; प्रतिपादन.

assess (v) पटी थारावप वा लागू करप; □ मोलावप; • **assessee (n)** करपात्र व्यक्ती; • **assessment (n)** कर आकारणी; पटी थारावप; □ अदमास; अंदाज; मोलावणी; • **assessor (n)** निर्धारक; कर थारावपी अधिकारी.

asset (n) मोलादीक वस्त; ठेवो; उपेगाचो गूण; • **assets (n)** व्यक्तीची वा कंपनीची पुराय आस्पत, संपत्ती.

asseverate (v) सोपुतान सांगप; आगऱ्यान मांडप; भावार्थ दिवप; चारचौगांत प्रतिपादप.

assiduity (n) लागून बाळगिल्ली चत्राय; घेतिल्ली जतनाय; जागृताय; पुराय लक्ष; □ कश्ट; मेनत; तकस; • **assiduous (adj)** लागून कश्टकाडो; धकचपाटे काडपी; जीव दिवन वावुरपी; उद्देगी; □ सादू.

assign (v) वावर वांटप; वावराचेर नेमप; □ सुवादीन करप; □ जागो, वेळ थारावप; □ आस्पत नांवार करप; □ कारण सांगप; • **assignment (n)** प्रकल्प; □ जबाबदारेचें काम; कार्यभार; □ कायद्यान हस्तांतरण.

assimilate (v) आपणावप; (खाण, जेवण, विचार) पचोवप; जिरोवप; आसपावन, मेळोवन घेवप; एकसारको करप; एक वस्त दुसरे वस्तीभाशेन करप; • **assimilation (n)** समावेशन; आपणावणी; आपलो भाग करप.

assist (v) आधार दिवप; सांगात दिवप; मजत करप; हाताखाला वावरप; □ हाजीर रावप; • **assistance** (n) आधार; पालव; मजत; • **assistant** (n) पालवी; हाताखाला वावुरपी; □ सांगाती; वांगडी; □ मजत करपी.

associate (n) सांगाती; वांगडी; □ भागी; भागीदार; भागेली; • (v) (वावरांत) वाटेकार जावप; सांगाताक रावप. • **association** (n) संस्था, संघटना; संघ; □ समाज; □ भागीदारी; सांगात; वांगड.

assort (v) वेंचप; वर्गीकरण करप; वेगळावप; पती वेगळ्यो काढप; • **assorted** (adj) जिनसांवार; तरेकवार; विंगड-विंगड; सगळे एकठांय पूण तरेकवार.

assuage (v) बुजवण दिवप; दुखाचेर फूक मारप; राग न्हेवोवप; थंडावप; समजावप; □ तान भागोवप.

assume (v) पुरावो नासतना मानून घेवप; खरें धरून चलप; मानून घेवप; □ कल्पना करप; □ अधिकार, सत्ता हातांत घेवप; □ सवंग करप; भासोवप; □ जापसालदाराकी पत्करप; भार घेवप; • **assumed** (adj) अडेवें; खरें न्हय अशें; मानिल्लें; □ मनांत बाळगिल्लें.

Assumption (n) जेजूची आवय मारीयचें सर्गीं चडप; • **assumption** (n) गृहीत धरिल्ली गजाल.

assurance (n) आग्वासन; खात्री; उतर; भावार्थ; पातयेणी; विस्वास; भरवंसो; □ विमो (पॉलिसी); • **assure** (v) खरेपण दिवप; उतर दिवप; धाकाय दिवप; दुबाव काडप; □ विमो उतरावप (पॉलिसी घेवप).

assurgent (adj) उदेतो; वयर सरपी; फुडें सरपी.

asterisk (n) फुली (*); नखेत्र; • (v) फुली करप.

asthma (n) उसरमट; उबस; भरण्या-पिडा; दमो; • **asthmatic** (adj) दम्यापिडेचो.

astir (adj) (न्हिदेंतल्यान) जागो आनी (हांतुणावयल्यान) उठिल्लो; कामाक लागिल्लो.

astonish (v) अजापांत घालप.

astound (v) अजापान चकामूर करप; भेशटावप; स्तब्ध करप.

astral (adj) नखेत्रांसंबंदीत; नखेत्रभरीत.

astray (adv) आडवाटेन; वांकड्या मार्गान; शेणिल्ले दिशेन.

astride (adv) पांय फांकारून; • (prep) दोनूय वटांनी.

astrologer (n) फळज्योतिशी; पारखी; फुडार वर्तुंपी; जोयशी (पोरणें उतर); • **astrology** (n) गिऱ्यांवयल्यान ज्योतीश, फुडार मागची कला; फळज्योतीश.

astronaut (n) अंतराळयात्री; अंतराळवीर; • **astronautics** (n) अंतराळयात्राविज्ञान.

astronomer (n) ज्योतिर्वीद; ज्योतिशशास्त्रज्ञ.

astronomical (adj) नखेत्रविद्येसंबंदीत; □ एकदम चड, आकांताचो (खर्च वी).

astute (adj) चतूर; □ कोलेबुद्दीचो; नाड.

asunder (adv) तिरत्यांनी; कुडक्यांनी.

asylum (n) पिडेस्तांचो, दुर्बळांचो आलाशिरो; आश्रयस्थान; □ पिशांक दवरपाची सुवात; □ लिपून वा राखणेखाला रावचेली सुवात; • **political asylum** (n) राजकी कारणाक लागून दुसऱ्या राज्यांत घेतिल्लो आश्रय.

atelier (n) चित्रसाळ; शिल्पसाळ; कलाघर; स्टुडिओ.

atheism (n) निरीश्वरवाद;

देवनास्तिक्यवाद; • **atheist (n)** देव ना म्हणपी; निरीश्वरवादी.

athlete (n) खेळगडो; कुडीच्या (शारिरीक) खेळांनी वांटो घेवपी; कसरती; पेलवान; मल्ल; • **athletics (n)** उकताडावयले, मळावयले कुडीचे (शारिरीक) खेळ; खेळांसर्ती; खुस्त्यो बी.

athwart (adv) एका पोंतासावन दुसऱ्या पोंतामेरेन; आडवो; आरपार.

atilt (adv) पालसो; लंवडल्लो; लकिल्लो; तिरकस.

atlas (n) (घो) ॲटलास; नकाशांचें पुस्तक.

atmosphere (n) भोंवतण; वातावरण; अंतराळ; वायुमंडळ; पर्यावरण; □ मनाची आवतिकाय.

atom (n) अणू; परमाणू; □ कण; कूस; बारकेल्यांतली बारीक वस्त; • **atomize (v)** अणूंनी वांटप; कणयो वा पूड करप; • **atom bomb (n)** अणूबॉम; • **atomic energy (n)** अणूउर्जा; • **atomic weapon (n)** अण्वस्त्र.

atone (v) प्रायश्चित घेवप; पानवळ भोगप; पिराचीत करप; □ केल्ले चुकीचें मोल मेजप; • **atonement (n)** प्रायश्चित; पिराचीत; पानवळ.

atonic (adj) गळसणलेलो; गळितगात्र.

atop (adv) तेमकार; तेंगशेर; माथ्यार; वयर.

atremble (adv) कडकडत; थरथरत.

atrium (n) उकतो चौक.

atrocious (adj) अत्याचारी; क्रूर; आगळिको करपी; • **atrocity (n)** अत्याचार; आगळीक.

atrophy (n) (कुडीच्या भागाचो रगत घोळनाशिल्ल्यान बी) इबाड.

attach (v) जोडप; बांदप; दसोवप; □ कायद्यान जप्ती हाडप; जप्त करप; • **attachment (n)** अगत्य; आपलेपण, ओड; अपुरबाय; मोग; □ जप्ती; ताबो.

attack (v) घुरी घालप; हल्लो करप; झुडून वचप; आगळीक करप; • **(n)** घुरी; हल्लो; आगळीक; □ झटको; वड; □ (घो) ॲटॅक; आताक.

attain (v) कश्टांनी पावप, जावप, मेळोवप; तड गांठप; प्राप्त करप; संपादप; (पिराय) गांठप; • **attainment (n)** प्राप्ती.

attaint (v) खतावप; दाग लावप; □ नांव इबाडप.

attemper (v) तकली थंडावप; शांत दवरप; □ न्हिवोवप; आटापांत दवरप; आवाक्यांत दवरप; योग्य प्रमाणांत भरसप.

attempt (v) खटपट, यत्न करप; □ **(n)** यत्न.

attend (v) उपस्थीत रावप; हाजीर रावप; □ नेमान चलप; □ (वावर) हातांत घेवप; लक्ष घालप; □ उपकरप; सांगाताक रावप; • **attendance (n)** उपस्थिती; हाजिरी; □ उस्तवारी; सेवा; • **attendant (n)** सांगाती; □ सेवेकार; सेवेक वांगडा रावपी.

attention (n) अवधान; ध्यान; लक्ष; चत्राय; जतनाय; • **attentive (adj)** जागरूक; चत्राय बाळगुपी; सादू; नदर दवरपी; □ नम्र.

attenuate (v) बळ उणें करप; बारीक करप; कस उणो करप; गळसणावप.

attest (v) प्रमाणीत करप; गवाय रावप; सोपूत घेवन सांगप; • **attestation (n)** प्रमाण; गवाय; खरेपण सिद्ध करूंक मारिल्ली म्होर; साक्षांकन.

attic (n) पोटमाळ्यावयली कूड; पोटमाळो.

attire (n) सणा-परबेचो भेस; खास न्हेसणां.

attitude (n) चलणूक; वागणूक; □ धारणा; मनाची अवस्था; सभाव; □ प्रतिक्रिया.

attorney (n) वकील; मुखत्यार; अधिकृत प्रतिनिधी; दुसऱ्याचे वतीन वावुरपाचे अधिकार जाका मेळ्ळ्यात तो; • **power of attorney** (n) मुखत्यार पत्र.

attract (v) (ध्यान, लक्ष) ओडप; ओड लावप; आकर्शीत करप; भुलोवप; • **attraction** (n) आकर्शण; ओड; भूल; • **attractive** (adj) ओडलायणो; मनभुलयणो; सुंदर; सोबीत.

attribute (v) श्रय दिवप; जापमालदार थारावप; संबंद दाखोवप; • (n) सभावधर्म; खाशेलो गूण; लक्षण.

attrition (n) घर्शणान वा घसटून आयिल्ली झीज; झरून वचप.

attune (v) सूर लावप; मेळ बसोवप; जुळोवन घेवप.

auberge (n) भोंवडेकारापासत धर्मसाळ; वाटेवयलो आलाशिरो.

auburn (adj) पिंगसो.

auction (adj) पावणी; लांस; • (v) पावणेर काडप; • **auctioneer** (n) पावणेर काडपी.

audacious (adj) धीट; भियेनाशिल्लो; कपशेचो; काळाचो; □ दांडगो; मस्तो; □ अविचारी; निलाजरो; शिमुड्डो; • **audacity** (n) धिटाय; धाडस; कपशी; □ दाडगाय; मस्तेपण; अविचारी धाडस.

audible (adj) आयकूंक येवपासारको; • **audience** (n) पळयतल्यांचो, आयकतल्यांचो जमो; सभा; □ आयकुपी वा पळोवपी; □ वाडले व्यक्तीन दिल्लें दर्शन; भेट; मुलाखत; □ कोर्टातली सुनावणी; • **audition** (n) आवाजाची तपासणी, परिक्षा; • **auditorium** (n) सभाघरांतली लोकांनी बसपाची सुवात; • **auditory** (adj) आयकुपासंबंदीत; • **audio-visual** (adj) आयकुपा-पळोवपाचो; • **audition test** (n) आवाज परिक्षा.

audit (n) हिशोबाची तपासणी; • (v) हिशोब तपासप; • **auditor** (n) मान्यताय-प्राप्त हिशोब तपासपी.

auger (n) (धवयाचो) गिरबो; गिरमीट; बरमो.

augment (v) वाडोवप; वाडप; मोटो करप; वाड करप; • **augmentation** (n) वाड; विस्तार.

augur (n) गेमन काळांतलो ज्योतिशी; फुडार-पारखी; • (v) फुडार वर्तवप; शकून काडप; • **augury** (n) फुडार; भविश्य; शकून; फुडाराची सुत्रूम; भविश्यगिन्यान.

August (n) ऑगस्ट म्हयनो; क्रिस्ती वसांचो आठवो म्हयनो; • **august** (adj) थोर; भव्य; म्हान; मानेस्त; पूज्य; पराक्रमी.

aunt (n) मावळण (आका, आतें); काकी; मामी; मावशी बी.

aura (n) फुलांचो परमळ; मंद वारो; पवित्र वातावरण; तेजोवलय; मनशाभोंवतणची वा वस्तूभोंवतणची फांक; शिरी; प्रभा.

aureola (n) प्रभावळ; तेजोवलय.

aural (adj) कानाचें; • **auricle** (n) कानपाळी; • **auricular** (adj) कानासंबंदीचें; कानांत सांगिल्लें; फुतफुतून सांगिल्लें; असवडीं सांगिल्लें; • **aurist** (n) कानांचो वैद्य.

aurora (n) जिळमिळें; फांतें; दक्षीण वा उत्तर ध्रुवीय उजवाड.

auspice (n) शकून पळोवन सांगिल्लो फुडार; □ आलाशिरो; राखण; आधार.

auspicious (adj) धारजण्याचो;

कल्याणकारी; पवित्र; मंगल; शुभ.

austere (adj) दिसूंक सरळ सादो; सभावान कडक; कठोर; संयमी; निर्मळ आचाराचो; भोगी जिवितापासून पयस रावपी; • **austerity (n)** संयम; पथ; कडकसाण.

authentic (adj) अस्सल; निजाचो; खरो; दुबाव नाशिल्लो; पातयेवपासारको; यथार्थ.

authenticate (v) (कागदां-पत्रांचेर) अस्सल, प्रमाण म्हणून म्होर मारप.

author (n) लेखक; बरोवपी; □ नवें कितेंय निर्मुपी; रचपी.

authority (n) अधिकारिणी; अधिकारी; □ जाणकार; तज्ञ; □ मान्यताय; • **authorize (v)** अधिकार दिवप; परवानगी दिवप; मान्यताय दिवप; • **authoritative (adj)** अधिकृत; सरकारी; पातयेवंक फावता असो; □ अधिकार गाजोवपी; □ (वृत्तीन) हुकूमशहा; • **authoritarian (adj)** हुकूमशाय चलोवपी; सत्ता गाजोवपी; दादागिरी करपी; • **authoritarianism (n)** सत्तावाद; निरंकुश शासन.

auto (adj) स्वयं (चलीत); आत्म (कथा); • **(n)** मोटार.

autobiograhy (n) आत्मचरित्र; आत्मकथा; आपजीण.

autocracy (n) एकाधिकारशाय; एकतंत्री कारभार; निरंकुश सत्ता; • **autocrat (adj)** एकाधिकारी; हुकूमशाय चलोवपी.

autogenic (adj) आपापूण रुजिल्लें वा उदेल्लें.

autograph (n) निशाणी; सय; □ लेखकाचें हातबरप; • **(v)** निशाणी करप.

automatic (adj) आपापूण चलपी; स्वयंचलीत; आपसूक चलपी.

automobile (n) मोटार (गाडी).

autonomous (adj) स्वायत्त; आपलो कारभार आपूण चलोवपी (दुसऱ्याक भितर पडूंक दिनासतना); • **autonomy (n)** स्वायत्तताय; स्वराज्य; जाचो कारभार ताणें चलोवप.

autopsy (n) मरणाफाटलें कारण सोदूंक मड्याची तपासणी; शवचिकित्सा.

autumn (n) सप्टेंबर, ऑक्टोबर आनी नोवेंबर ह्या तीन म्हयन्यांचो काळ (अस्तंतेच्या देशांनी); □ आश्विन आनी कार्तिक; शरद रुतू.

auxiliary (adj) आधारी; पालवी; □ पालव दिवपी; मजत करपी.

avail (v) उपेग करून घेवप; उपेग जावप; गरज करप; लाव घेवप; • **(n)** आदाव, उपेग, लाव (न्हयकारांत वापरपाचीं); • **available (adj)** मेळटा तसली (वस्त); हातांत घेवपाची; ताब्यांत येवपाची.

avalanche (n) तुफान; मोड; बर्फाचो लोट.

avant-garde (n) खासा करून कला, संगीत आनी साहित्यांत तुर्ताक चलता ताचे परस नवें सादर करपी पंगड; अग्रणी; सुदारकांचे अग्रदूत; म्हालगडे.

avarice (n) वसवस; सोंपनाशिल्ली आस; हांव; • **avaricious (adj)** आशेभगत; आशेचो; वसवसो.

Ave Maria (n) माय मारीयची प्रार्थना; प्रार्थना करचेलो तिनसांजचो वेळ; आमोरी.

avenge (v) सूड घेवप; बदलो घेवप.

avenue (n) दोनूय कडांनी रूख आशिल्लो मार्ग; मुखेल रुंद रस्तो; □ संद; जैताकडेन व्हरपी वाट; □ प्राप्तीचें साधन.

aver (v) प्रतिज्ञेन सांगप; सोपुतान सांगप; नेटान मांडप.

average (n) सरासरी; • **(adj)** चालंत; सामान्य; हेरांसारको.

averment (n) प्रतिपादन; म्हणणें;

सांगणें; विधान; दावो.

averse (adj) उरफाटो; प्रतिकूल; मनाआडचो; □ (वावराची) नसाय आशिल्लो; • **aversion** (n) नसाय; कंटाळो; वीट.

avert (v) चुकोवप; टाळप; कूस मारप; मारतें घेवप; वाटावप.

aviary (n) शेवणीं पोसपाची सुवात.

aviate (v) विमान चलोवप; विमानान भोंवप; • **aviation** (n) विमान, हॅलिकॉप्टर बी चलोवपाचें शिक्षण; • **aviator** (n) विमान चलोवपी; पायलट.

avid (adj) उत्सूक; उमळशीक लागिल्लो; जाच्यान गवूं नजो असो; □ वसवसो; ल्हेवटो; भुकेल्लो; सोस लागिल्लो. • **avidity** (n) उमळशीक; उत्सूकताय; वसवस; सोस.

avocation (n) छंद; नाद; □ उद्देग; काम-धंदो.

avoid (v) चुकोवप; टाळप; वाटावप; □ आडावप; □ (कायदो) नूल करप.

avouch (v) (बरें म्हणून) गवाय दिवप; खरेपण दिवप; भरवंसो दाखोवप; □ गवाय रावप; सोपूत घेवप.

avowal (n) मान्यताय; सगल्यां सामकार दिल्ली कबुली; हयकार.

await (v) रावप; वाट पळोवप; □ तयार रावप; वांट्याक येवप.

awake (v) (निद्रेतल्यान) उठप; जागो जावप; जागरूक रावप; • (adj) जागरूक; जागृत; सादूर.

award (n) पुरस्कार; इनाम; तसरीप; बक्षिस; □ (कोर्टाचो) निर्णय; निवाडो; • (v) इनाम दिवप; फावो करप.

aware (adj) जाण आशिल्लो; सादूर; चत्रायेचो.

away (adv) पयस; पेल्यान; कडेक; कुशीन; भायर; □ दिगंतराक.

awe (n) कांच; भंय; **awestruck** (adj) कांच घेतिल्लो; कांचवेल्लो; भियेवन गुळी जाल्लो.

awhile (adv) घटकेखातीर; थोडो वेळ मेरेन; थोड्या वेळापासत.

awkward (adj) अडचणेचो; अवघड; घुसपणेचो; □ अबडदबड; कामाक उपकरना असो; □ अन्नाडी; विद्रूप.

awl (n) तोपण; दाबण.

awn (n) कणसाचो गोंडो.

awning (n) दाराचें वा जनेलाचे पाखाटें.

awry (adj) पालसो, एकेचटेन लंबडल्लो; आडमार्गान गेल्लो; चुकीचे वाटेर पाविल्लो.

axe (n) पाळ; कुराड; • (v) कापां करप, कुडके करप; • (खर्च) कातरप.

axiom (n) स्वयंसिद्ध तत्व; अणभवाच्या कसार थारिल्लें तत्व; सिद्धांत.

axis (n) आंस; □ दोन वा अदीक देशांची आघाडी; हातमेळणी.

axle (n) आंस; कणो; वारीस; • **axle tree** (n) गाडयेच्या दोनूय चक्रांमदल्यान वता तो वारांव.

ay, aye (int) हय! आं! बरें!

ayah (n) आया; भुरग्यांक सांबाळपी बायल.

azure (adj) निळो; मळबा-रंगाचो; • (n) मळबा-रंग; □ निवळ मळब.

B b

B b रोमी अक्षरमाळेचें दुसरें अक्षर.

babble (v) बडबडप; उलयतना व्हांवप; कित्याकितें उलोवप; □ लुडबें वा चोंचरें उलोवप.

babe (n)ल्हान भुरगें; बाळक.

babel (n) कलकलाट; खळखळ; बोवाळ.

baboon (n) सुण्या तोंडाचो, व्हड जायेसाचो एक वानर.

baby (n) ल्हान भुरगें; बाळक; अर्भक; □ चलीभुरगें; □ बायजण; • **baby food (n)** भुरग्याचें अन्न.

bachelor (n) लग्न जावंक नाशिल्लो मनीस; आंकवार दादलो; □ पदवीधर; विद्यापिठाची पदवी जोडल्या असो.

bacillus (n) पिडा पातळावपी जंतूंची एक जात.

back (n) फाटली वट; फाट; • **(v)** फाटबळ दिवप; मजत करप; □ (कित्यांतलेंय) आंग काडप; □ (घोड्याचे बी) फाटीर बसप; • **(adv)** आदीं; फाटल्यान; • **on the back** फाटकुळेर; • **back bencher (n)** बसकेंत नगाक बसपी वांगडी.

backache (n) फाटीची फोडाफोड; फाटीचो कसकस.

backbite (v) असवडीं निंदप; चाडयो, धवळे करप; • **backbiter (n)** चाडयाळो.

backbone (n) फाटीचो कणो; □ धिगी; तेंको; खांबो.

backdoor (n) मागिलदार; गुपीत वाट.

backer (n) दुडवांचें फाटबळ दिवपी; □ पैज मारपी; वडा मारपी.

background (n) फाटलो इतिहास वा म्हायती; फाटभूंय; फाटली वट; • **background music (n)** पार्श्वसंगीत; आधारी संगीत.

backing (n) फाटबळ; तेंको; मजत; समर्थन.

backlash (n) खर प्रतिक्रिया.

backlog (n) करपाचो उरिल्लो वावर.

backstage (adj) पड्ड्या फाटल्यानच्यो; गुपीत (वाटाघाटी).

backward (adj) अन्नाडी; मागसार; सुधारूंक नाशिल्लो; फाटीं उरिल्लो; □ भिडेस्त; □ मंद; • **(adv)** फाटले वटेन; • **backwardness (n)** मागसारपण.

backwater (n) उदकाचें कोंड; □ खारीज मारून भितर हाडिल्लें वा आडायल्लें दर्याचें उदक.

backyard (n) पोरसूं; मागिलदारचें आंगण.

bacon (n) मिठाक मारून सुकयल्लें दुकरा-मांस.

bacteria (n) पिडा पातळावपी सामके बारीक जंतू; • **bacteriology** (n) जंतूशास्त्र.

bad (adj) वायट; दुश्ट; पाडो; उणाक; बास्कळ; □ इबाडिल्लो; पाड; • **badly** (adv) गरजेन; चड करून; वायट तेरेन; सामको; • **bad debt** (n) बुडीत रीण.

badge (n) (घो) बॅज; बिल्लो; वळख दिवपी तगड.

badger (v) सतावप; छळप; फाट धरप.

badminton (n) (घो) बॅडमिंटन.

bad tempered (adj) जाका गेखडेंच कुर्र जाता असो; परपरत तिडपी.

baffle (v) आडमेळें हाडप; घुमपावप; गोंदळावप; दुबावांत घालप; निर्फळ करप.

bag (n) (घो) बॅग; पोतो; पोतें; साक; गोणी; • (v) जिकप (इनाम).

bagatelle (n) किरकोळ वस्त.

baggage (n) प्रवास वा भोंवडेचे सामान; साटली-पोटली; गबाळें.

baggy (adj) हुमकळणी; धील; सदळ.

bagpipes (n) एक वाद्य.

bail (n) जामीनकी; हमी; जामीनकी दिवपी व्यक्ती; जामीन रावपी व्यक्ती; • (v) जामीन दिवप; (२) विमानातल्यान मनशेचो उपेग करून भायर उडी मारप; □ होडयातलें उदक भायर ओतप.

Bailey bridge (n) सैन्यान गरजेक घडयल्लो पूल (सर डी बेली हांचो रचणूक जाल्ल्यान Bailey).

bailiff (n) (घो) बेलीफ; न्यायालयाचो एक सेवक; □ कारभारी; मुकदम.

bait (n) गरयेक लावपाचें हांयस; • (v) हांयस दाखोवप; □ तिडावप; फाट धरप; □ जनावरांचे हाल, वळवळे करप.

baize (n) कांबळ; रग.

bake (v) (खोर्नात) भाजप; • **baker** (n) उंडे, पाव बी भाजपी; पदेर; • **bakery** (n) (घो) बेकरी; जंय उंडे, पाव, बिस्कुत्यो बी करतात तें ठिकाण; खोर्न.

balance (n) (वजन करपाचो) कांटो; तागडी; □ तोल; संतुलन; □ (दुड्यांची) उरिल्ली रकम; येणी वा देणी शिल्लक; बाकी; • (v) जोखप; तोल सांवाळप; □ जमाखर्च जुळोवप; • **balance sheet** (n) बाद-बाकयेचो तर्जुमो; ताळेबंद; तेरीज-पत्रक; • **balanced** (adj) समतोल.

balcony (n) बलकांव; शेजो; □ थिएटरांतली प्रेक्षकांची माळी.

bald (adj) माथ्याक केंस नाशिल्लो; खरड पडिल्लो; खडडो; बोडको; □ सडेतोड (सांगणें).

balderdash (n) नसती झांक; बडबड.

bale (n) गठ्ठो; गामडी; पोटली; □ अरिश्ट; संकश्ट; • (v) गठ्ठो दोरयेन बांदप.

baleful (adj) नश्टो; दुश्ट; पाडो.

balk, baulk (v) आडमेळें हाडप; फटोवप; निर्शणी भेगोवप; □ वचूंक अनमनप; • (n) आडमेळे; आडखळ; □ वांसो.

ball (n) पेल्ल; चेंडू; बोल; □ गुठल; गुळी; गुळो; □ दोऱ्यातली मंडोळी; □ येवरोपी नाच.

ballad (n) गितांतल्यान सांगिल्ली एक काणी; कथनकाणी; पोवाडो; वीरगीत.

ballast (n) खडी.

ballet (n) नाचांत बसयल्लें नाटक; नृत्यनाटिका; □ नाचप्यांचो पंगड.

balloon (n) वयर वचपी व्हड रबरी

फुगो वा बोमाडो.

ballot (n) गुपीत मत; • **ballot box (n)** मतदान पेट; • **ballot paper (n)** मतपत्रिका; • **ballot system (n)** गुपीत मत दिवपाची रीत.

balm (n) कसकस वा दुखीचें मलम.

balsam (n) वासाचें मलम; एक फुलझाड (हाच्या फुलाचे रंग बदलत आसतात).

baluster (n) गरादीचो नक्षीचो खांबो.

balustrade (n) कोरांतिल्ल्या खांब्यांची गराद.

bamboo (n) कोंडो; मान; वेळू; • **blade of bamboo (n)** वेळ.

bamboozle (v) नागोवप; फटोवप; गोंदळावप; चिकान करप.

ban (v) कायद्यान बंदी घालप; मना करप; अमकें करूं नाका म्हणून फर्मावप (कायद्यान); • **(n)** बंदी; मनाय; सरकारी आडावणी.

banal (adj) चालंत; खाशेलपण नाशिल्लो.

banana (n) केळें; • **bunch of bananas (n)** घड; घडावलें; फेणो.

band (n) (घो) बँड; वाजप; □ पंगड; □ (बांदपाची) दोरी; फाळी; पट्टी; • **bandmaster (n)** बँड वाजोवपी पंगडाचो मेस्त्री; संगीत संचाचो दिग्दर्शक; • **rubber band (n)** रबर बँड.

bandage (n) (घो) बँडेज; घाय वा फाड बांदचेली फाळी; मलमपट्टी; • **(v)** बँडेज करप; घायाचेर मलमपट्टी करप.

bandicoot (n) कोळहुंदीर; व्हड घूस.

bandit (n) वाटचोर; लुटमारो; वाटेर आडावन लुटपी.

band saw (n) पात्या करवत.

bandy (v) उतराक उतर दिवप; वादावादी करप; दिवप तशें घेवप.

bane (n) श्राप; शिराप; □ नाशाक कारण जाल्ली वस्त वा व्यक्ती; □ (हुंदराचें) वीख.

baneful (adj) घातमारो.

bang (n) ठो आवाज (दार बी धांपिल्ल्याचो); गरनालाचो, नाळीचो, स्फोटाचो बी आवाज; • **(adv)** अचकीत; अवचीत; आवाज करून; गाजघडघडान.

banger (n) गरनाल; आवाज करपी वस्त.

bangle (n) कांकण; कडें; वाळो; • **bangle seller (n)** वळार.

banian, banyan (n) वड; □ (घो) (आंगावयलें) बानयान.

banish (v) गांवाभायरो करप; फर्मानावरवीं शिमेभायर धांवडावप; □ मनांतल्यान विचार बी काडून उडोवप; • **banishment (n)** सरादेभायर धांवडावपाची फर्माविशी; हद्दपारी.

banister (n) इस्कादेची गराद; गरादेचे वारांव.

banjo (n) एक तंतूवाद्य.

bank (n) (घो) बँक; दुडवां-वेव्हाराची संस्था; □ न्हंयची तड, देग वा कांठ; □ वेळेवयली रेंवेची रास; □ पाणटो; • **(v)** बँकेत दुडवां-वेव्हार करप; □ निंबून रावप; दुसऱ्यांचेर पातयेवन रावप; • **banker (n)** (घो) बँकर; बँकेचो कारभारी.

bankrupt (adj) खांकनवाळ; उद्येग-धंद्यांत दिवाळें काडिल्लो; रिणां फारीक करची तांक नाशिल्लो; कंगाल; • **bankruptcy (n)** दिवाळें.

banner (n) घुडी; बावटो; बनेर; □ भौशीक सुवातेर जायरातीपासत लायिल्लो पड्डो; □ माथाळो.

banquet (n) आमंत्रितांखातीर खाशेलें जेवण; पंचपक्वान्नांचें जेवण; प्रीतिभोज; मोगाचें जेवण.

banter (v) फकाणां करप; भगल्यो मारप; तिडावप; कोलावप.

baptism (n) क्रिस्तांव धर्मांत आसपावन घेवपाचो धर्मीक विधी; (क्रिस्तांवांत) भुरग्याक नांव दवरपाचो विधी.

bar (n) आडबारें; आडामो; □ (शाब्बाची बी) कांडी; □ वारांव; लोखणी सळी; □ न्यायालयांत आरोपीक उबो करतात ती सुवात; वकिलीचो वेवसाय; □ (घो) बार (सोऱ्याचो); • (v) जनेलाक वारांव लावप; □ (लोकाक) भायर दवरप; प्रवेश आडावप; • **barring** (adv) खेरीज करून; सोडून; कुशीक दवरून.

barb (n) गरयेचो उरफाटो कांटो; • **barbed** (adj) कांट्यांची (सरी).

barbarian (n) रानवट; हेंगाडी; असंस्कृत; क्रूर.

barber (n) केंस मारपाचो वेवसाय करपी.

bard (n) कवी; □ भाट (राजाची तुस्त गावपी दरबारांतलो कवी).

bare (adj) उकतो; नागडो; आंगार कांय नाशिल्लो; □ पांको; □ सादो; □ गरजेपुरतो; • **barefaced** (adj) निलाजरो; शिमुड्डो; कोडगो; • **barefoot** (adj) अनवाणी; पांयांत जोतें बी नाशिल्लो; उकत्या पांयांनी भोंवपी; • **barely** (adv) फकत; निखटो; गरजे पुरतो.

bargain (v) वांटपण करप; बदप; • (n) वाटपण; घासाघीस; □ सवाय खोरदी; आदावाचो वेव्हार.

barge (n) (घो) बार्ज; पडाव; म्हालावें उकतें होडें; एक तारू; • **bargee** (n) तांडेल.

bark (n) झाडाची साल; वल्कल; □ पनेळ; होडें; □ सुण्यानें भोंकप; • (v) सुण्यान भोंकप; □ सुण्याभाशेन आंगार येवन आड्डप; केंच्च करप.

barley (n) सातू; सवाद.

barm (n) फेणेर; फेस; • **barmy** (adj) फसफसपी; □ तकली धाऱ्यार नाशिल्लो; आवटो.

barometer (n) हवामान मापचेलें साधन.

baron (n) (घो) बारांव; आदल्या काळचो मोटो भाट-बेंसकार.

barque (n) पातमारी; शिडांचें तारू.

barrack (n) सैन्याची बराक; □ मांगर; • (v) हुशायो घालप; कुयो घालप.

barrage (n) उदक आडावंक घाल्लो व्हड बांद; आडमेळें; □ लागून केल्लो मारो; भडिमार (गुळयांचो, प्रस्नांचो, पावसाचो बी).

barrel (n) लाकडाचें पीप; बल्ल; दोण; □ आर्माची वा तुबकाची नळी.

barricade (n) आडावण; आडबारें; • (v) आडबारीं, आडावणां घालून वाट आडावप; • **barrier** (n) आडावण; अडचण; कंय; दुरीग; वणत.

barrister (n) (घो) बॅरिस्टर (इंग्लंडांतली कायद्याची पदवी).

barrow (n) दोन चक्रांचो हातगाडो.

barter (n) जिनसाबदली जिनस दिवन केल्लो व्यापार वेव्हार; • (v) बेशर्टेच वगडावप.

base (n) आधार; तळ; बुनयाद; मूळ; □ सैन्याचें थाणें; • (adj) उणाक; दानत नाशिल्लो; • (v) आधारप; बसोवप; • **baseless** (adj) मूळ नाशिल्लो; □ आधार नाशिल्लो; □ असत्य (मुद्दो); • **baseness** (n) उणाकपण; हीनपण.

basement (n) तळघर; तळमजलो.

bashful (adj) भिडेस्त; कंगशेवपी; लजेस्त.

basic (adj) बुनयादीचो; मुळावो; सुर्वेचो;

म्हत्वाचो; • **basic assumption (n)** मुळांत धरिल्ली गजाल; • **basic education (n)** मूलोद्योग शिक्षण.

basil (n) तुळस.

basilica (n) व्हडली इगर्ज.

basin (n) न्हंयक फांटे मेळटात ती रुंद सुवात; □ पाणटो; □ तस्त; कदें; कोळमी.

basis (n) मूळ आधार.

bask (v) वत आंगार घेवप; वतायें न्हाण घेवप; वत उकत्या आंगार घेवचें सूख भोगप.

basket (n) कंडो; पाटलो; पांटुलो; कुरपणो; • **basketry (n)** मानीचीं सुपां, दालयो, कुरपणे, खोटले बी करपाची कारागिरी.

bastion (n) कोटाचो (किल्ल्याचो) बुरूज; बुरींग; □ तत्वापासत झुजपी मनीस; प्रसंगार घट रावपी मनीस वा वास्तू.

bat (n) क्रिकेट खेळपाचें बॅट; □ पाखो; वागोळें; • **(v)** बॅटींग करप.

batch (n) पंगड; वर्गण; भाग; चुडी.

bated (adj) (स्वास) अजापान, भंयान थांबिल्लो.

bath (n) न्हाण; (भुरग्यांचे भाशेंत) घुशू; • **bathe (v)** न्हावप; • **bathroom (n)** न्हाणी; मात्रें.

batik (n) लुगटाचेर रंगीत चित्रां बी छापचेली एक तरा.

batiste (n) मलमल; सुती वायल.

baton (n) पोलिसांच्या हातांतलें बेत वा दांडूल (हें लाठयेपरस ल्हान आसता); □ गावपी पंगडाच्या मेस्त्रीच्या हातांतलें बेत.

batsman (n) (घो) बॅटस्मॅन; फलंदाज.

battalion (n) सैन्याची पलटण; फौजेचो व्हड पंगड.

batten (n) फळयो एकठावंक मारपाची पट्टी; • **(v)** वसवशेप्रणान भकप; दुसऱ्याच्या म्हालवजार मौजा मारप.

batter (v) पेट दिवप; लडो घालप; □ खर टिका करप; • **(n)** तांतीं, दूद बी घालून कालयल्लें पीठ.

battery (n) (घो) बॅटरी; वीज वा उजवाड निर्मुपाची वस्त; □ तोफो, नाळी बी दवरपाची कोठी.

batting (n) (घो) बॅटींग; फलंदाजी.

battle (n) झूज; लडाय; रण; • **(v)** झुजप; लडाय करप; • **battlefield (n)** झुजागाळ; रणभूंय; रणांगण; • **battleship (n)** झुजा-तारूं.

bauble (n) नकली, बनावटी वस्त; दिसूंक भारदस्त पूण मोल नाशिल्ली वस्त; (खरें कशें दिसपी खेळण्यांतलें पिस्तूल बी).

bauxite (n) जाचेपासून आलुमीन करतात अशें खनीज.

bawdy (n) पोजड्यो गजाली वा विनोद रुचीन सांगपी; • **(adj)** पोजडो.

bawl (v) आड्डप; किळांचप; होळम घालप.

bay (n) दर्याचो, न्हंयचो भुंयेंत रिगिल्लो वाटकुळसार फांटो; खाडी; आखात; उपसागर; □ रस्त्यार मोटारी दवरपाखातीर थारायल्ली सुवात; □ (वासाउपरांत) शिकारी सुण्यायें भोंकप.

bayonet (n) तुबकाक, आर्माक मुखार लायिल्ली सुरी; संगीन.

bazaar (n) बाजार.

beach (n) दर्यविळ; दर्यदिग.

beacon (n) शिटकावणेपासत ऊंच सुवातेर पेटयल्लो जाळ; शिटकावणेचो तसो वाट दाखोवपी ऊंच खांब्यावयलो दिवो; दीपस्तंभ; फोलेर; फारोल.

bead (n) पिड्डूक; मणी; गुटी; □ तिबो; थेंबो; • **beads (n)** जपा-माळ; रोजरी.

beak (n) चोंच; बोंचो.

beaker (n) (घो) बिकर; प्रयोगशाळेंतलें चोंचीचें कंवचेचें आयदन; पियेवपाचें व्हड कप; चोंचीचें आयदन.

beam (n) (घो) बीम; पाटी; वांसो; □ उजवाडाचो झोत; उजवाडा-किरण; तिरपी; □ हांशाची फांक; □ तागडेचो आडवो दांडो.

bean (n) धापीचें कड्डण (चणो, आवरो बी).

bear (n) आंसवेल; □ रानवट मनीस; □ मंदीचेर व्यापार करपी दलाल; • **(v)** (जापसालदारकी) आंगार घेवप; (मस्ती) चलोवन घेवप; (संतत) जन्माक घालप; सोंसप; • **bearable (adj)** सोंसपासारकें (वातावरण); तांकता तितली (जापसालदारकी); आटापा येवपासारकें.

beard (n) खाड.

bearer (n) (एकादरी वस्त) धरपी; सांबाळून धरपी, हाडपी, व्हरपी; □ उल्याचो चाकर; हॉटेलांतलो उलो मारिनाफुडे येवपी नोकर.

bearing (n) ठेवण; नुरा; धारणा; □ चलणूक; वागणूक; तरा; □ परिणाम; सबद; □ यंत्रांतलें 'बॉल बॅरींग'.

beast (n) पशू; सावद; रानवटी जनावर; □ जनावर (मनीस); क्रूर मनीस; • **beastly (adj)** जनावर कसो; क्रूर.

beat (v) धपके घालप; बडोवप; पेटप; मारप; □ (धोलके बी) बडोवप; आवाज काडप; □ (काळीज) धडधडप; (ठोके) पडप; □ सर्तीत दुसऱ्याक फाटी घालप; हारोवप; बालांडप; • **(n)** आवाज; ठेको; • **wooden beater (to make surface smooth) (n)** पेटणें.

beau (n) मोग-पिसो; फुलगो; (फकाणांनी) न्हवरो.

beauty (n) सुंदरताय; सोबिताय; सोबाय; रूप; सौंदर्य; □ म्हत्व; खाशेलपण; □ सुंदर चली; **beauty queen (n)** रुपाची राणी; रूपसुंदरी; • **beauty spot (n)** सोबीत सुवात; पळोवपासारकें थळ; □ पोल्यावयलो बी सुंदर तिबो; • **beauteous (adj)** रुपान सुंदर; देखणो; सोबीत; • **beautiful (adj)** सुंदर; सोबीत; □ दोळ्यांक सुखायणो; रुपेस्त.

beaver (n) खाडकेक राखण दिवपी हॅलमॅटाचो भाग; □ एक न्हवेचो प्राणी.

because (conj) कारण; कित्याक; अशें, तशें म्हणून; लागून; देखून.

beck (n) दोळ्यानी वा हातांनी केल्ली इशारत; खुणावणी.

become (v) घडप; (कोण तरी) जावप; सोबप; □ आंगाक जिस्ताजिस्त बसप; □ सारकें दिसप; सारकें चलप.

bed (n) बिछानो; हातरूण; • बाज्ज; खाट; □ न्हयचें पात्र; □ मातयेचो तळ; थर; • **bedding (n)** प्रवासांतले हांतरूण, पांगरूण; कवळो; बिटकी (मुस्तायकी); □ गोरवांक बसपाखातीर पातळायल्लें तण; • **bed bug (n)** भिकूण; • **bed ridden (adj)** हांतरूण धरिल्लो; • **bedroom (n)** न्हिदपाची कूड; • **bed sore (n)** हांतरुणावयल्या पिडेस्ताक जाल्लें चवन; • **bedspread (n)** चादर; गोजडी; • **bed time (n)** न्हिदपाचो वेळ.

bedaub (v) रंग सारोवप; माखप.

bedeck (v) सजोवप; नेटोवप; शृंगारप.

bedlam (n) गोंदळाची आनी बोवाळाची सुवात; □ पिशांक दवरपाची सुवात.

bee (n) भोंवर; म्होंवा-मूस; • **bee-hive (n)** पोळें; मालें; • **bee-keeping (n)** म्होंवामूस पोसप; • **bee-line (n)** नीट वाट; सरळ रस्तो; • **bees' wax (n)** पोळ्यांतलें मेण.

beef (n) गोरवा-मांस.

beer (n) बीयर; सेर्वेज.

beestings (n) गोरूं वियेतकूच काडिल्लें दूद; कीट; दीख.

beet (n) बीट (भाजी).

beetle (n) दांगे आशिल्लो किडो; घुंगुल्लो; भोंवर.

befall (v) (संकश्ट वा प्रसंग) येवप; येवन पडप; □ (रात) पडप.

befit (v) चप्प बसप; सारकें जावप; सोबप.

befog (v) धुक्यांत वा धुंवरेंत रेवडप; घुसपप.

befool (v) पिशांत काडप; शिंगां लावप; □ घात करप.

before (adv) आदीं; पयलीं; मुखार; फुडें; • **(prep)** (ता)चे आदीं; (ता)चे फुडें; मुखार; सामकार.

beforehand (adv) आदींच; (घडचे, जावचे) पयलीं; आगावू.

befoul (v) हळशिकावप; म्हेळावप; मचकटावप.

befriend (v) इश्टागत करप; □ आधार करप; मजत करप.

beg (v) मागप; गळवज्ञा येवप; □ भीक मागप; हात फुडें करप (मागपाखातीर).

beget (v) जल्माक घालप; आवय, बापूय जावप; □ तयार करप; उत्पन्न करप.

beggar (n) भिकारी; • **beggarly (adj)** भीकमागो कसो; लाचार.

begin (v) आरंभ करप; सुरू करप; • **beginner (n)** नवो शिकपी; शिकूंक आरंभ करपी; • **beginning (n)** आरंभ; सुरवात; □ आदि; मूळ.

begrudge (v) दुस्वास करप; मत्सरान जळप; शिणप; □ मनांत नासून दिवप.

beguile (v) फटोवप; भूल घालप; □ रिजोवप; □ वायट मार्गाक लावप.

behalf (n) पक्ष; हीत; वट; अर्द; • **on behalf** वटेन; अर्दान.

behave (v) वागप; बरो वेव्हार करप; चलप.

behaviour (n) चाल-चलणूक; वर्तन; आचरण; वेव्हार; कर्तूब.

behead (v) गोमटी उडोवप; तकली कातरप.

behest (n) आज्ञा; फर्मावणी; फर्माविशी; हुकूम; ओर्द.

behind (prep) फाटी; • **(adv)** फाटल्यान; □ **(n)** फाटली वट; • **behind one's back** अपरुखीं; असवडीं; एकादऱ्याचे गैरहजेरींत.

behove (v) गरज लागप; जाय जावप; □ फावो आसप; वांट्याक येवप; □ सोबप.

being (n) अस्तित्व; आसा तें; आसा अशें दिसता तें; □ सजीव प्राणी; • **Supreme Being (n)** ईश्वर; देव.

bejewelled (adj) हिरे माणकांनी सजयल्लो; रत्नजडीत; रत्नखचीत.

belabour (v) पेट दिवप; धपके घालप; बडोवप; फोडून काडप; □ (उतरांनी) उजरावप; झाडून काडप; □ बडबडत रावप; तेंच तेंच सांगप.

belated (adj) चड कळाव करून आयिल्लो; काळखांत घुसपल्लो; शेणिल्लो.

belaud (v) तुस्त करप; तोखणाय करप; थुळेणी करप.

belch (n) ढेंकर; • **(v)** ढेंकर दिवप; □ (फाराचो बी) धुंवर सोडप.

beleaguer (v) रेवाडो घालून नाका-पुरो करप.

belfry (n) इगर्जेची घांट बांदिल्ली आसता ती ऊंचेली सुवात; घूड.

belie (v) बळाचे नदरेन उणो पडप; □

निर्णेणेंत पडप.

belief (n) भावार्थ; भरवंसो; विस्वास; □ समज; □ धर्मश्रद्धा; • **believe (v)** खरें धरप; भावार्थ दवरप; विस्वासप; • **believer (n)** भावार्थी व्यक्ती; देव मानपी; आस्तिक.

belittle (v) (दुसऱ्याक) किरकोळावप; अपमान करप; उणाक लेखप.

bell (n) घांट (देवळांतली, इगर्जेची बी); कसलीय घांट; □ घांटीचो घणघण; गजर; आवाज; • **bell the cat (v)** माजराच्या गळ्याक घांट बांदप; लोकाच्या हिताखातीर आपणें संकश्टाक फुडो करप.

belle (n) रुपेस्त, सुंदर बायल.

bellicose (adj) झगडाळ; □ झुजाक फुरफुरपी देस; • **belligerence (n)** झुज चलता त्या वेळावयली परिस्थिती; • **belligerent (adj)** झुजात वांटो घेवपी (देस).

bellow (v) बैलाचें मोट्यान हामेवप; गरड घालप; ढेंक दिवप; □ दुस्खान किळांचप.

bellows (n) भातो; फुंकणी.

belly (n) पोट; आदोड; कोठो

belong (v) मालकेचें आसप; वांगडी आसप; गांवचो आसप; नातें, संबंद आसप.

belongings (n) आसत; म्हालवज; माटली-पोटली; आपले जिनस वा वस्तू.

beloved (adj) मोगाचो; प्रिय; **(n)** मोगी; मोगीण; प्रिय व्यक्ती.

below (adv) तळाक; पोंदा; सकयल.

belt (n) पटो; □ भुंयेची शीर; • **(v)** पट्यान बांदप; पट्यान मारप.

belvedere (n) जंयच्यान सोबीत देखाव दिसता ती दोंगुल्ली; मुजरत बांदिल्ली ऊंचाट; (घो) आल्तिन्य; मोंत.

bemoan (v) पिरगप; नशिबाक दूशण दिवप.

bemuse (v) चाळांत घालप; मत गोंदळावप.

bench (n) बसपाचो बांक; □ न्यायाधिशाचें आसन; न्यायाधिशांचो पंगड; खंडपीठ.

bend (v) बाग घेवप; पोंग घेवप; बागोवप; वाकडें जावप; मोडण घेवप; □ (नेम) घुंवडावप; • **(n)** बाग; पोंग; मोडण.

beneath (adv & prep) तळाक; सकयल; पोंदा.

benediction (n) आशिर्वाद; बेंसांव.

benefaction (n) उपकार; दानधर्म; बरी करणी; • **benefactor (n)** दुसऱ्याक पावपी; दानधर्म करपी; बरें करपी; □ आलाशिरो दिवपी.

beneficience (n) दानधर्म; परोपकार; • **beneficient (adj)** दयाळ; बरें करपी; • **beneficial (adj)** उपेगाचो; आधाराक पावपी; बऱ्याचो; हिताचो; • **beneficiary (n)** एकादऱ्याच्या मरणाउपरांत जाका ताची आस्पत वा दुडू मेळटा तो; हिताधिकारी; • **benefit (n)** आदाव; फायदो; लाव; • **(v)** हिताक पडप; फायदो जावप.

benevolence (n) दुसऱ्याचें बरें करपाची इत्सा; • **benevolent (adj)** मोगाळ; दयाळ; □ दुसऱ्याचें कल्याण करपी; हीत करपी.

benighted (adj) काळवांत सांपडलेलो; गोंदळ्ळेलो; □ अन्नाडी; गिन्यान नाशिल्लो.

benign (adj) (सभावान) दयाळ; मोगाळ; मायेस्त; □ (भूंय) पिकाळ; □ (वारें) शितळ; □ (पिडा) निवळचेली; (घातमारी न्हय अशी).

bent (n) पोंग; बाग; मोडण; लकणी;

□ **(adj)** नमळायेन बागवलेलो; □ पोंग पडिल्लो; □ हट्टेक पेटिल्लो.

benthos (n) दर्यातली वनस्पत वा जीवसृश्ट.

benumb (v) भेरावप; तकली चलनाशी करप.

bequeath (v) मरणपत्रांतल्यान कोणाक तरी आस्पत दिवप; आस्पत दवरून वचप; • **bequest (n)** मरणपत्रांतल्यान दिल्ली आस्पत.

berate (v) उतरांनी तापोवप; शेडावप.

bereavement (n) वियोग; मरणाक लागून जाल्ली हानी; • **bereaved (adj)** आपलो मनीस भायर पडिल्ल्यान दुखेस्त.

berg (n) बर्फाचो दोंगर; हीमगिरी; हीमखडो.

berry (n) एक म्होंवाळ ल्हान फळ.

berserk (adj) रागान ताबो वगडायल्लो; बेभान जाल्लो.

berth (n) (घो) बर्थ; गाडयेंत वा बोटींत न्हिदपाचो बांक; □ बंदर; तारूं धक्याक लागपाची सुवात; □ काम; नोकरी.

beseech (v) गळवज्ञा येवप; काकुटेक येवप; विनवणी करप.

beside (prep) कुशीक; म्हऱ्यांत; लागीं; • **beside the point** विशयाक सोडून.

besides (adv, prep) हाचे खेरीज; हाचे भायर.

besiege (v) रेवाडो घालप; घेरो घालप.

besmear (v) सारोवप; फासप; लेपडप.

besmirch (v) मचकटें करप; म्हेळें करप; विटोवप; □ दाग लावप.

besom (n) लांब बडयेची सान्न.

besotted (adj) पियेवन तर्र जाल्लो; सुरांटो; □ भान वगडायल्लो.

bespatter (v) निंदा करप; खेपप; गाळींचो शिवर घालप.

bespeak (v) जाय म्हण पयलींच सांगून दवरप; म्हाल मागोवप; सुचोवप; इत्सा परगटावप.

best (adj) सगल्यांत बरो; बेस बरो; चड सोबीत; • **(adv)** बरें; बरे भाशेन.

bestial (adj) रानवट जनावर कसो; क्रूर.

bestir (v) आपणाक कामापासत जागोवप; कामाक लावप.

bestow (v) पदवी प्रदान करप; ओंपप; अर्पण करप.

bestride (v) पांय फांकारून बसप; धेंपां घालून चलप.

bet (n) पैज; • **(v)** पैज मारप; (पयशांनी) खेळप; दावाक लावप.

betake (v) आलाशिरो घेवप; आलाशिऱ्याक वचप; धांवप.

betel (n) शेऱ्याचें पान; खावचें पान; • **betelvine (n)** पानवेल; • **betel-nut (n)** सुपारी; • **uncasked betel-nut (n)** फोफळ; • **bunch of uncasked betel-nuts (n)** शिपटें.

betray (v) विस्वासघात करप; □ घातान आपल्या मनशाक धरून दिवप; फितुरी करप; □ गुपितां फोडप; • **betrayal (n)** विस्वासघात; फितुरी.

betroth (v) सोयरीक करप; लग्नाचें उतर करप; साखरपुडो करप.

better (adj) अदीक बरो; बलायकेन बरो; निवळ्ळेलो; • **(adv)** आनीक बरे तरेन; परस चड; • **(v)** उदरगत करप; निवळावप; • **betterment (n)** उदरगत; विकास; सुदरप; हीत.

between (prep) मदीं; मजगतीं; • **(adv)** आपसांत; आपले भितर; खासगींत.

beverage (n) तयार केल्लें पेय (च्या, कॉफी, सोरो बी).

bevy (n) (चलयांचो, बायलांचो) जमो; (शेवण्यांचें) भिरें.

bewail (v) विकळापण; व्हडान रडप.

beware (v) चन्नायेन रावप; सादर रावप, करप.

bewilder (v) घुसपागोंदळांत पडप, घालप; चाळांत पडप, घालप; • **bewilderment** (n) घुसपागोंदळ; कुवाडें.

bewitch (v) जादू करप; करणी करप; फुसलावप.

beyond (prep) पेल्यान; पेलेवटेन; तडीक; वाटाराभायर; हाताभायर; • (adv) फुडें; मुखार; सामकार.

biannual (adj) वर्सांक दोन फावट; स म्हयन्यांनी एकदां.

bias (n) थारिल्ली मनोधारणा; पूर्वग्रह; □ ओड; लकणी; • (v) मनात पूर्वग्रह भरप.

bib (n) लाळेर; लाळयें.

Bible (n) बायबल; क्रिस्तावांचो धर्मग्रंथ (पोरणो आनी नवो करार).

bibliography (n) एकाच वेगवेगळ्या वा विशयावयल्या पुस्तकांनी नामावळ; संदर्भ ग्रंथांची जंत्री; संदर्भग्रंथसूची.

bicameral (adj) दोन खणी (विधीमंडळ); दोन सदनांचें.

bicentenary (n) २०० वो वर्सदीस; द्विशती.

bicker (v) कारणाय कारीत रावप; फडफडप; लहान लहान गजालींपासत झगडप.

bicycle (n) सायकल.

bid (n) प्रयत्न; खटपट; □ पावणेचो लांस; • (v) लांस घालप; □ प्रयत्न करप; □ हुकूम दिवप; □ निरोप धेवप; • **bidding** (n) आगोवणें; फर्माणी.

biennial (adj) दोन वर्सांनी एक खेप पडपी.

bier (n) मेल्ल्या कुड वा कायशांव व्हरपाचो गाडो; खिडबिडी; ताटी.

bifurcate (v) दोगीं करप, जावप; दोन वाटे करप.

big (adj) मोटो; व्हड; जाणटो; म्हत्वाचो.

bigamy (n) लग्नाच्यो दोन बायलो वा लग्नाचे दोन घोव आसप (कांय देसांनी हो गुन्हाव मानतात).

bigot (n) मताचे बाबतींत वादी, हटी, कुड्डी; • **bigotry** (n) बुद्दीचो उपेग करिनासतना एकाद्या मताक दमून रावप (अदीक करून धर्माचे बाबतींत).

bijou (n) रत्न; दागिनो; लहान वस्त.

bilateral (adj) दोन कुशींचो; दोन पंगडांचो.

bile (n) पित्त; □ खुबळ्ळेलें पित्त; पित्तविकार; तापिल्ली तकली; फडफडे.

bile tree (n) आंबाडो.

bilingual (adj) दोन भाशांचो (प्रदेश; ग्रंथ; उलोवपी; शिकपी)

bilk (v) लिपून रावन फायदो करपाचें चुकोवप; कूस मारप.

bill (n) विधेयक; कायद्याचो मसुदो; □ हिमगाचो आकडो; □ पत्रक; □ चोंच; • **bill of exchange** (n) हुंडी; • **bill of rights** (n) अधिकार विधेयक.

billiards (n) (घो) बिलियार्ड; एक खेळ.

billion (n) फ्रान्स आनी अमेरिकेंत अब्ज 1,000,000,000; इंग्लंड आनी जर्मनींत महापद्म 1,000,000,000,000.

billow (n) व्हडलें लहार.

bimonthly (n) दोन म्हयन्यांनी एक फावट येवपी कितेंय; द्विमासिक.

bin (n) (पसऱ्याच्या बारीक माल वा कड्डण दवरपाच्यो) पत्र्याच्यो, प्लास्टिकच्यो बी उकत्यो काशी; □ (भात दवरपाची) कोठी.

bind (v) बांदप; एकठांय बांदप; चरांटून बांदप.

binder (n) (घो) बायंडर; बांदणी करपी; बांदपाखातीर वापरपाची वस्त; पुस्तकांचें बायंडींग करपी.

binoculars (n) पयसुल्ल्यो वस्तू पळोवपाचें उपकरण; दुर्बीण.

bio-data (n) जीवनी; व्यक्तीसंबंदान म्हायती; वळख-चित्र.

biographer (n) चरित्रकार; चरित्रलेखक; • **biography** (n) चरित्र; जिवितकथा.

biology (n) जीवशास्त्र (वनस्पती सयत); • **biologist** (n) जीवविज्ञानिक; •**biopsy** (n) जीवोतक परिक्षा (शरिराचो कुडको काडून ताची तपासणी करप).

bird (n) सवणें; सुकणें; शेवणें; पक्षी; • **bird's-eye view** (n) ऊंचल्यान दिसपी देखावो; उडटी नदर (विमानांतल्यान भुंयेर कितें घडलां ताची पळोवणी).

birth (n) जल्म; आरंभ; मूळ; □ कूळ; वंश; • **birthday** (n) जल्मदीस; वाडदीस; • **birthmark** (n) जल्मासावन आंगार आशिल्ली कुरू, तीळ बी; • **birthright** (n) जल्मसिद्ध अधिकार; • **birthplace** (n) जल्मथळ; जल्मगांव; • **birth-rate** (n) जननप्रमाण.

biscuit (n) बिस्कूत.

bisect (v) दोन सारके वांटे वा कापां करप.

bishop (n) (क्रिस्तांव धर्मांत) खाशेल्या प्रांताचो वा प्रदेशाचो धर्मगुरु, धर्माधिकारी; (घो) बिशप; बिस्म; • बुद्धिबळांतलो उंट.

bison (n) गवो रेडो (अमेरिकन).

bit (n) ल्हान कुडको; इल्लोसो वेळ; अंश; □ ठेको; □ गिरबो, पातें.

bitch (n) कोल; कोलगें; कोलूक; कोली.

bite (n) घांस; घांसाक लागून जाल्लो घाय; • (v) घांस मारप; चाबप; दांत लागप.

bitter (adj) कोडू; □ खर; □ वायट; दूखदिणो; • **somewhat bitter** (adj) आडूक; • **bitter gourd** (n) कारथें.

bitumen (n) डामर; बिरेव.

bivouac (n) सैन्याचो रातीपुरतो उकताडार राबितो.

bizarre (adj) दिसूंक विलक्षण; विचित्र; विकट.

blab (n) बडबड; झांक; • (v) बडबडत रावप; बडबडटना भान वगडावप; गुपीत सांगून मेकळो जावप.

black (adj) काळो; • (n) काळो रंग; □ निग्रो; • **blackboard** (n) फळो; • **blacken** (v) काळो करप; काळें लावप; (नांव) इबाडप; • **blacking** (n) काळो लेप; • **blacklist** (n) नाका जाल्ल्या वा दुबावीत मनशांची नामावळ; • **blackmail** (v) भानगड उकताडार हाडटलो म्हणून भय घालून पयशे हातासप; • **black market** (n) काळो बाजार; गरजेच्या म्हालाची चोरयां म्हारग दरान विक्री; • **black-out** (n) पुराय काळोख (झुजावेळार बी केल्लो); • **Black Maria** (n) बंद्यांक व्हरपाची पोलिसांची गाडी.

bladder (n) मुत्राशय; □ भातो; □ रबराची पोती.

blade (n) पातें; सुरी; □ तणाचें, मानीचें बी पातें; □ (घो) ब्लेड.

blain (n) उदकाळ फोड.

blame (v) दूशण दिवप; चुकीक जापसालदार धरप; किचांट घालप; • (n) दूशण; किचांट; आरोप; अपसरण; • **blameless** (adj) निर्दोश; निरपराधी;

दृश्णविरयत.

blanch (v) धवो करप; धवो फटफटीत पडप.

bland (adj) (स्भावान) गोड; (सैम) शितळ; शांत.

blandish (v) (वायट काम करून घेवंक) चण्या झाडार चडोवप; फुसलावप.

blank (adj) कोरो; रितो; • **blank cheque** (n) जाचेर आकडो घालूंक ना असो निशाणी आशिल्लो वा नाशिल्लो चेक; पुराय अधिकार.

blanket (n) बुरणूस; कांबळ; पांगरूण.

blare (v) मोट्यान उलोवप; हॉर्न, शींग वी मोट्यान वाजोवप; • (n) व्हड आवाज; कान फोडपी आवाज.

blasphemy (n) देवाविशीं अनादर; देवाच्या खेबड्यो, टवाळ्यो, विदर्णा; • **blasphemous** (adj) देवनिंदक.

blast (n) गाडवेच्या हॉर्नांचो, वाद्यांचो वी मोटो आवाज; □ स्फोट; □ वाऱ्याचो जोराचो झोत; • (v) सुरींग लावन फोडप.

blatant (adj) निलाजरो; उगडो-नागडो; बोभाटो; खेतबागडा करून आपणाकडेन लक्ष ओढून घेवपी.

blaze (n) उज्या-केण; उज्या-लोळ; □ झगझग; □ ओगाचो, रागाचो स्फोट; • (v) उजो भगभगप; झगझगप; चकचकप; रागान पेटप.

blazer (n) गाड रंगाचें जाकीट.

bleach (v) धवोफुल्ल करप; वनांत रंग विट्टन धवो जावप.

bleak (adj) थंड, उकती, उबत (सुवात); □ खंती; निर्शेणेची (परिस्थिती).

blear (adj) अभूक; अस्पश्ट; सारकें दिसना अशें.

bleat (v) बोकडेभाशेन 'बें बें' करप.

bleed (v) रगत येवप, व्हांवप; □ (काळीज) कळवळप; □ ध्येयापासत सोंसप (जखमी जावप, मरप).

blemish (n) खत; दाग; दुशण; • (v) इबाडप; दाग लावप; नांवाक काळें लावप.

blench (v) भंयान फटफटीत पडप; धीर वगडावप; गळसणून वचप; आंग काडप; फाटीं सरप.

blend (v) मेळ घालप; मेळोवन सोंवितांय हाडप; सुरमेळ सादप; एकजीव करप; विरगळावप; • (n) एकजीव केल्लो जिनस; मेळ सादिल्ली वस्त; • **blender** (n) (गदचेकुडींतलो) मिक्सर, ब्लेंडर; भरसुपाचें, एकजीव करपाचें उपकरण.

bless (v) आशिर्वाद दिवप; कृपा करप; कृपा जावप; कृपा मागप; दया, राखण मागप; दया, राखण मेळप; □ बेंसांव घालप; बेमाव पडप; • **blessing** (n) आशिर्वाद; कृपा; कुर्पा; (घो) बेमाव.

blether (v) पचपचींत उलोवप; भजभजप.

blight (n) वनस्पतीक लागिल्लो एक रोग; ह्या रोगाची कीड; □ भितल्लेभितर पोखरून नश्ट करपी पिडा; □ शांतली पडग सुवात; • (v) कीड लागून इबाडप.

blind (adj) आधळो; कुड्डो; □ समज नाशिल्लो; आवरणें नाशिल्लो; धरबंद सोडिल्लो; • **blindfold** (v) दोळ्यांचेर पट्टी बांदप; दोळे बंद करून दिसनाशें करप; • **blindness** (n) आंधळेपण; कुड्डेपण.

blink (v) दोळे पिटपिटावप; दोळे बारीक करून पळोवप.

bliss (n) सर्गसूख; पुराय धादोसकाय; सासणीक संतोस; • **blissful** (adj) सुखान उपाट भरिल्लो.

blister (n) गरमेक लागून कातीचेर आयिल्लें कटटूल वा उदकाळ फोड.

blithe (adj) प्रसन्न; सुखी; खुशालभरीत; आलमीखुशाल.

blitz (n) (झुजांत विमानांनी बी) नेटान अचकीत घाल्ली घुरी; केल्लो हल्लो; • **(v)** सगल्या बळान हल्लो करप.

blizzard (n) कऱ्यांचें मोड; हीमतुफान.

bloat (v) मोटो करप; फुगोवप; □ गर्वान फुगप; □ नुस्तें मिठाक मारून धग दिवप.

block (n) (घो) (छापचेलो) ब्लॉक; (कितेंय धाडावचेली) फातर; लाकडाचो मणकुटो; ठोकळो; □ आडबारें; □ इमारतींचो पुंजो; इमारतींतले खण; • **blockade (n)** नाकेबंदी; वाटबंदी; आडावण.

blockhead (n) पिसाय.

blond (adj) (केंस) पिंगशे, भांगरी; (रंग) गोरो; • **(n)** पिंगश्या केसांची गोरी व्यक्ती; • **blonde (n)** अशी बायलमनीस.

blood (n) रगत; रक्त; □ कूळ; वंश; प्रकृती; • **blood capillary (n)** रक्तकेंसर; • **blood circulation (n)** रगताची घोळटीक; • **blood feud (n)** कुळवैर; घराण्यांघराण्यांतलें वैर; • **blood group (n)** रक्तगट; • **blood revenge (n)** रगतान घेतिल्लो सूड; हत्यासूड; • **blood transfusion (n)** कुडीक दुसऱ्या रगताची पुरवण; • **blood vessel (n)** रक्तवाहिनी; • **blood-bath, blood-shed (n)** रक्तन्हाण; रक्तखेव; • **bloodsucker (n)** रगत लुचपी; दुसऱ्याक खेळोवन फायदो काडपी; जळू; • **bloody (adj)** रक्तबंबाळ; रक्तभरवण; • **bloody fool (n)** महामूर्ख.

bloom (n) चंवर; फुलोर; • **bloomy (adj)** कवकवीत; चंवर आयिल्लो; फुलोर आयिल्लो.

blow (n) (दुखखाचो बी) धपको, आघात; दुर्दैवाची घुरी; अचकीत आयिल्लें संकश्ट; □ दांड्याचो धपको; □ स्फोट; □ वाऱ्याचो झोत; • **(v)** वारें सुटप; वाऱ्यान उबप; □ (शेनाय बी) वाजोवप; □ फुगोवप; □ खरशेवप; धांपेवप; □ स्फोट घडोवप; • **blower (n)** इंगळे फुलोवचो भातो; • **blow pipe (n)** फुंकणी; नळी.

blub (v) हुडक्यांनी रडप; हुडकेवप; • **blubber (v)** हिमट्यांनी व्हडान रडप; होळोम घालप.

bludgeon (n) गदा; तोंडको; दांडो; • **(v)** तोंडक्यांनी मार मार मारप; गदा हाणप.

blue (adj) निळो; नितळ मळबा-रंगाचो; □ खंती; • **(n)** निळो रंग; □ नीळ; • **blue-print (n)** (घो) ब्लू प्रिंट; कितेंय घडोवपाचें, बांदपाचें आसता ताचो नकसो, पूर्वचित्र; • **bluish (adj)** निळसो.

bluff (v) आपलेविशीं तालां मारप; तड्डकां सांगून फटोवप; • **(n)** फट; ताल; फटास; तड्डक; □ ऊंच उबें देगण.

blunder (n) गंभीर चूक; मूर्खपणान केल्ली चूक; • **(v)** गंभीर चूक करप; वाट लावप.

blunt (adj) दाखय-लिपय नाशिल्लें; भीडभाड्याविरयत; सडेतोड; स्पश्ट; □ मुनिल्ली, इबाडिल्ली (धार).

blur (adj) अंधूक; अस्पश्ट; हय-न्हयसो; • **(n)** खत; दाग; दूशण; • **(v)** अंधूक वा अस्पश्ट करप, जावप.

blurb (n) पुस्तकाच्या वेश्टणावयलें पुस्तकासंबंदीत वर्णन.

blurt (v) येवजिनासतना पचक्क करून उलोवप; (उलयतना) व्हांवत वचप; बडबडटना गुपीत सांगप; □ वेर वचप.

blush (v) लजप; लजेन पोले तांबशे जावप.

bluster (v) आइडून सांगप; शिगे ताणून उलोवप; □ आपलेंच पेंपारें वाजोवप; □ दादागिरी करप; □ (वाऱ्याचें) घोंगेवप; (लहानांचें) गाजप; (कुपांचें) गडगडप; • **(n)** घमेंड; बडाय; बडवाचार; □ वाऱ्याचो झणझण.

boa (n) एक मोटें जिवाणें.

boar (n) रानदुकर; दुकर.

board (n) (घो) बोर्ड; नावाचो बोर्ड; फलक; □ फळी; फळें; □ मंडळ; समिती; • **(v)** वाहनांत भितर सरप; • **blackboard (n)** फळो; • **cardboard (n)** पापेलाब; खड्डो; • **board of directors (n)** संचालक मंडळ; • **board of studies (n)** अभ्यास मंडळ.

boarder (n) खानावळींत नित्याक जेवपी (विद्यार्थी वा); हॉस्टेलात राबपी; • **boarding house (n)** विद्यार्थ्यांची जेवपा-राबपाची माडणी आशिल्ली सुवात; वसते-घर.

boast (v) बढाय मारप; आपलीच वडवीक गावप; आपले सबदीं फटाशा मारप; • **(n)** बढाय; नसती वडवीक.

boat (n) बोट; तारू; होडें; • **(v)** होड्यांत बसून भोंवप; • **boatman (n)** तांडेल.

bob (n) बॉब (कट); बायलांचे केंस मानेमेरेन कापून केल्ली केसांची माडणी; • **(v)** वयर-सकयल झेल पेवप.

bobbin (n) (घो) बॉबीन; सूत गुठलावपाची खणकी.

bobby (n) (इंग्लंडांत) पोलीस.

bode (v) बायटाची पयलीच मुलूम लागप; पूर्वसुचोवणी मेळप.

bodice (n) चोळी; पोलको.

bodkin (n) चड्डेक वी नाडी घालपाचें तोंक नाशिल्लें तोपण; □ आंकडो.

body (n) (जीव आशिल्ल्यांचो) कूड; आंग; काया; देह; शरीर; □ धड; कांड; □ मडें; प्रेत; जीव नाशिल्ली कूड; □ पंगड; मंडळ; धा जाण; • **bodyguard (n)** मनशाक राखण दिवपी राखणदार; पोलीस; • **side of man's body (n)** कडवळ.

bog (v) चिखलांत रोंवून पडप; आडखळून उरप; • **(n)** चिखल; रेबट.

bogey (n) हावू; कल्पनेंतलो भय.

bogie (n) आगगाडयेचो डबो.

bogus (adj) नकली; बनावट; फटींचो; (घो) बोगस.

boil (n) फोड; □ उदकाचो बोमाडो; • **(v)** बोमाडे येवप मळमळावप; खतखतावप; □ (मनांत) खतखतप; खूबळप; जळप; • **boiler (n)** उदक तापोवपाचें आयदन; बंब; □ वाफ निर्माण करपी टांकी.

boisterous (adj) खवदळ घालपी; घोसोळ घालपी, वल्लेतूय धरना, सुणांतूय धरना असो; अती उत्साही.

bold (adj) धाड्शी; धीट; भय नाशिल्लो; घट काळजाचो; कपशेचो; संकश्टावेळार फुडे सरपी; हुशार; □ दोळ्यांत भरसाकीं (अहंग); उठावदार; □ उर्मट; गर्विश्ट; मस्तो, निलाजरो; • **boldness (n)** धाडस; □ मस्ती; उर्मटपण.

bollard (n) तारू जाका बांदतात तो धक्क्यायलो खांबो; □ दोन रस्ते मेळटात त्या चौकार मदी बादतात तो खांबो.

bole (n) झाडाचें काड; लाट; लोटिंगो.

bolster (n) लोड; वरखून बसपाचें उशें; • **(v)** वरखून बसप, तकली तेकोवप; आधार दिवप.

bolt (n) खिळो; आडामो; □ बेड्याचो खिळो; मळमूद; • **(v)** (दाराक) खिळी घालप; आडामो घालप; □ खिळ्यान घट करप; □ चाबनासतना भकभक गिळप;

□ पळून वचप.

bomb (n) बॉम; स्फोट घडोवन हाडपाची वस्त; □ (आवाज दिवपी) खोजनो; गर्नाल; • **bombard (v)** एका फाटल्यान एक बॉमांचो मारो करप; □ प्रस्नार प्रस्न करप. • **bombardment (n)** भडिमार; □ गाळींचो शिवर करप; • **bomber (n)** बॉम उडोवपी विमान; • **bombshell (n)** बॉमगुळो; • **to drop a bombshell (v)** थटाकून सोडपी खबर सांगप; (खबरेचो) बॉमगुळो उडोवप.

bombast (n) नसती बडबड; पोक्यो बडायो.

bona fide (adj) अस्सल; प्रामाणिक; • **(adv)** बऱ्या हेतान; बऱ्या मनान; मनापासून; • **bonafides (n)** प्रामाणिकपण; बरो हेतू; सद्भाव.

bond (n) बंधन; बेडी; चिकटावपी जिनस; □ नातें; □ करार; कबलात-पत्र; हमी-पत्र; • **(v)** नात्यान बांदप; • **bondage (n)** बंदेपण; गुलामी; वेट.

bone (n) हाड; अस्थी; □ (नुस्त्याचो बी) कांटो; • **bone of contention (n)** झगड्याचें कारण; • **bone setter (n)** हाडांचो गांवठी वैज; • **bony (adj)** हाडकुटो.

bonfire (n) पाल्याचो, पत्र्याचो बी उकताडार घाल्लो उजो; जाळ; होळी.

bongo (n) एक वाद्य.

bonnet (n) भुरग्याचें वा बायलेचें फिताचें चेपें; □ मोटारीच्या इंजिनावयलें धांपणें.

bonny (adj) गुटगुटीत; सुंदर (बाळक).

bonsai (n) सोबेचें ल्हान झाड.

bonus (n) बोनस; कंपनीक जाल्ल्या फायद्याचो पगारार आशिल्ल्यांक दिल्लो वांटो.

bon voyage (int) तुमची भोंवडी सुखाची जावं!

boo (v) हुशयो घालप.

booby (n) अकलेन उणो; अरवळ.

book (n) पुस्तक; पटी; ग्रंथ; • **(v)** (जागो, बसका बी) पयलीं पयशे भरून आडावन दवरप; (घो) बूक करप; • **bookcase (n)** पुस्तकांची आरमार; □ **booking clerk (n)** प्रवासाच्यो, नाटकाच्यो बी तिकेटी बूक करून दवरपी क्लार्क; • **booklet (n)** पुस्तिका; • **book seller (n)** पुस्तकां विकपी; • **bookworm (n)** दीसरात पुस्तकां वाचीत बसपी; □ पुस्तकांक लागपी एक जीव, कीड; • **account book (n)** हिसबा-पटी.

boom (n) तेजी; अचकीत आयिल्लो तरतर; उदरगत; बरकत; चड पिकावळ; • **(v)** (व्यापारांत बी) तेजी येवप; बाजार तरतरप; □ नांव जावप; बोवाळ जावप.

boomerang (v) उडयल्लें, सोडिल्लें अस्त्र परतून आंगार येवप; दुसऱ्याचेर केल्लें आपणाचेर शेकप.

boon (n) देवाची देण; कृपा; वरदान; □ आदाव.

boor (n) रीतरवीस कळनाशिल्लो; अन्नाडी.

boost (n) नेट; फाटबळ; □ तरतर; वाड; • **(v)** नेट दिवप; मुखार सरूंक फाटबळ दिवप; • **booster (n)** बळगें वाडोवपी; नेट दिवपी.

boot (n) बूट; मोचो; □ मोटारींत सामान दवरचेली सुवात; • **(v)** बूट मारप; खोंट मारप; फांपार मारप; धांवडावप.

booth (n) तत्पुरत्या कामाक उबारलेली ल्हान कोठी; • **telephone booth (n)** टेलिफोन करपाची मार्गावयली कोठी; • **voting booth (n)** मतदान केंद्र.

bootlegger (n) लिपचोरयां (कायदो मोडून) सोरो करपी वा विकपी.

booty (n) झुजांतली लूट; लुटीचो म्हालवज.

booze (n) सोरो; • (v) सोरो चड पियेवप.

border (n) सराद; शीम; मेर; देग; कड; □ गोट; • (v) सरादेक तेंकून आसप; □ (लुगटाक) गोट लावप; • **borderline** (n) सरादेची वळ.

bore (n) बुराक; बोंथो; आर्माचें नळयेचो भितल्लो घेर; □ आपणाले बडबडीन उबगण हाडपी मनीस; • (v) बुराक करप; □ उबगण हाडप; • **boredom** (n) उबगण; कंटाळो.

borough (n) नगर; लहान शार.

borrow (v) उश्णें घेवप; रीण काडप.

bosom (n) हड्डें; छाती; □ काळीज; हृदय.

boss (n) धनी; मालक; स्वामी; □ सत्ता गाजोवपी; माथ्यावयलो मुकदम; • (v) सत्ता गाजोवप; □ माथ्यार बसप.

botany (n) वनस्पतशास्त्र; • **botanical garden** (n) वनस्पती उद्यान (वनस्पतीचो अभ्यास करपाक).

botch (v) (वावर) कशाकसो करप; वेटी वावर करप; कशाकसो दुरुस्त करप; इबाडप; • (n) इबाडिल्लें काम.

both (adj) दोगूय; • (pron) दोग जाण; दोगूय जाण.

bother (v) किटकीट करप; करंदाय घालप; धोंसप; □ हुसको काडप; • (n) त्रास; पिडा; करंदाय.

bottle (n) शिसली; बाटली; शिसो; • (v) बाटल्यांनी भरप; • **bottleneck** (n) गचमुड्डी.

bough (n) खांदो; ताळो.

boulder (n) खडप; तळप; शिळा; फातर.

bounce (v) पेल्ल वी आपटून परतां येवप; उसळप; □ चेक वटनासतना परतां येवप; • **bouncing** (adj) गुटगुटीत (भुरगें); उडणां मारपी.

bound (adj) बांदिल्लो; लग्नीक; • (v) शीम वा मेर घालप; □ लग्नीक आसप; □ बांदिल्लो उरप; • **boundary** (n) सराद; शीम; मेर; देग; • **bounden** (adj) लग्नीक; बांदिल्लो; • **boundless** (adj) अगड; शीम-मेर नाशिल्लो.

bounty (n) दान; देणगी; उदारताय.

bouquet (n) फुलां-तुरो; फुलां-झेलो.

bourgeois (adj) मध्यमवर्गी; धवाढो.

bout (n) (कितेंय करंक) खर्चिल्लो वेळ; जातूंत कितेंय घडलें असो वेळ; पिडेन खाल्लो वेळ; □ खुस्ती वा बॉक्सींगचो खेळ.

boutique (n) (घो) बुतीक; जंय प्रसाधनाच्यो वस्तू मेळटात अशें दुकान.

bovine (adj) गोरवाभाशेन; तकलेन मंद; सुस्त; जड; □ गोरवांच्या वर्गांतलो.

bow (n) बाग; □ धणु; धनुष्य; कमटो; □ तंतुवाद्यांचो गज (बो); □ धवयालें गिरमीट • (v) बाग घेवप; मान खाला घालप; नमतें घेवप; • **bow sting** (n) धणूची दोरी.

bowel (n) मलाशय.

bower (n) बागेंतलो वाली-माटव.

bowl (n) वाटी; वाडगो; कुलेराचो खोल भाग; • क्रिकेट खेळांत बॉल घालप; बाद करप; • **bowler** (n) क्रिकेट खेळांत बॉल घालपी; बॉलर.

box (n) कास; पेट; □ थिएटरांत कुटुंबाक वी बसपाचे खाशेले खण; □ न्यायालयांत गवाय उबो रावता तो खण.

boxing (n) (घो) बॉक्सींग; मुठीं-झूज;

मूठमारी.

boy (n) पूत; चलो; भुरगो; • **boyhood (n)** किशोरावस्था; भुरगेपण; भुरगी पिराय: • **boyish (adj)** भुरग्या-सबावाचो; पोरांटो कसो.

boycott (n) बहिश्कार; • **(v)** बहिश्कार घालप; म्हालाचेर वा म्हाल विकता ताचेर एकवट करून बहिश्कार घालप.

brace (n) जोडी; □ कितेंय घट बांदूंक वा जोडूंक उपकरावचेली कांब वा दोरी; • **(v)** घट धरप.

bracelet (n)कांकण; कडें; मनगटाचो पटो; तोडो; • **bracelet of waste (n)** काण.

bracket (n) (घो) ब्रॅकेट; वणटीवयल्या फळ्याक पेलपी वणटीक लायिल्लो फुकटो; कितेंय हुमकळावंक वणटीक लायिल्लो लाकडाचो कुडको; • **brackets (n)** बरपांत वापरतात ती अर्दचंद्राकृती कुरू; कंस ( ); **into brackets:** कंसांत; कंसांत भितर.

brackish (adj) मातशें खार; खयणुटें.

brad (n) तोपरें नाशिल्लो एक चेपटो खिळो; • **bradawl (n)** ल्हान बुराक करपाचें आवत.

brag (v) जाणवायो सांगप; फटाशो मारप; आपले बडवाचार गावप; • **braggart (n)** जाणवाय; घमेंडी.

braid (n) गोट; झालर; देग; बादी; विणी; • **(v)** सोबोवप; गुथप; विणी घालप; गोट लावप; • **braid for hair:** हळी.

braille (n) (घो) ब्रेल; आंधळ्यांखातीर घडयल्ले लिपयेचें नांव.

brain (n) मेंदू; • **brains (n)** अक्कल; बुद्दि; मत; • **brain power (n)** बुद्दीचें बळ; बुदवंत लोक; • **brainwave (n)** अचकीत सुचिल्ली येवजण; स्फूर्त.

brake (n) (घो) ब्रेक; गती-आडावण; चक्राची वा गाडयेची गती मंदावपाचें वा थांबोवपाचें साधन; □ झिली, झोपां गच्च आशिल्ली सुवात; • **(v)** ब्रेक लावप; गती मंदावप; थांबोवप.

bran (n) कुंडो; भुसो.

branch (n) खांदो; फांटो; (रस्त्याचो, न्हंयचो, रुळाचो बी) फांटो; **branch of a subject** उपविशय; **branch of an office** मुखेल कार्यालयाचो फांटो.

brand (n) धंद्याची वा व्यापारी म्हालाची खाशेली कुरू; खूण; छाप; मुद्रा; शिक्को; (देखीक, 'गाय' छाप तूप); □ वळखीपासत गोरवांचेर बी मारिल्लो तापयल्ले वस्तूचो बूट वा दाग; • **(v)** व्यापारी म्हालाक 'छाप' दिवप; □ बूट वा दाग मारप.

brand new (adj) नवोताल्ल; नवो करकरीत.

brandish (v) तरसाद बी वावडप.

brash (adj) उर्मट; आंगार पडपी; मस्तेन दुसऱ्याचे वाटेक वचपी; मस्तो.

brass (n) पितूळ.

brassiere (n) चोळी.

brat (adj) दुवाड, शिस्त नाशिल्लो (भुरगो).

bravado (n) पोको झेत; नेट.

brave (adj) धाडशी; घट काळजाचो; पराक्रमी; कपशेचो; □ भियेनासतना संकश्टाक फुडो करपी; • **(v)** प्रसंगाक तोंड दिवप; • **bravery (n)** धाडस; पराक्रम; • **bravo (int)** शाब्बास! वा! वा!

brawl (n) बोबाट मारून केल्लें झगडें; □ उपद्रव; कलकलाट; • **(v)** कालांकुतां काडून मोट्यान झगडप.

brawn (n) कुडीची शक्त; बावळ्यां-बळ.

bray (n) गाढवाची ऑकिणी; कर्कश आवाज.

brazen (adj) पितळेची (वस्त); □ नाक नाशिल्लो; निलाजरो.

brazier (n) कोळशाची लोखणी शेगडी; □ कांसार; पितळेचें काम करपी.

breach (n) खाबटें; चर; भेताळो; □ भंग; मोडप; • (v) (कायदो) मोडप; (नातें) तोडप; □ खाबटें पडप; • **breach of the peace:** शांततायेचो भंग; • **breach of promise:** उतरघात.

bread (n) उंडो; पाव; □ भाकरी; गेटी; • **daily bread** दिसपट्टो गास; अन्न; • **bread and butter** :दिसपट्टे जोडीचें साधन; • **breadless** (adj) उपाशी; • **bread-winner** (n) घराव्याचो जोडकार.

breadth (n) रुंदाय.

break (v) (वस्तूचे वा कित्याचेय) कुडके करप; कुडके जावप; फोडप; फुटप; मोडप; (उतर) मोडप; (सबद) तोडप; (भोंवडी) थाबोवप; (यंत्र) चलपाचे बद जावप; मोडप; :: थोडासो विसव घेवप; मातसो गवप; • (n) (वावरांत पडिल्लो) खंड; (वावर करतना घेतिल्लो) विसव; रजा; □ (काळोख सोंपिल्ल्यान उजवाडलेलें) फातें; • **breakage** (n) फूट; (वस्तू फुटिल्ल्यान जाल्लें) लुमकान; • **breakdown** (n) किर्तेय मदींच मोडप (गाडी वी); • **nervous breakdown:** मानसिक असंतुळा; मनावयलो ताबो वचप; • **breakfast** (n) सकाळचें खाण; नास्तो; • **breakneck** (adj) अतीजलद; चड वेगाची, घातमारी (गती); • **breakthrough** (n) मोटो सोद; नव्या सोदांत येस; आडमेळ्यांचेर जैत.

breast (n) हड्डें; छाती; ऊर; □ स्तन; धान; मोमो; • **breastplate** (n) हड्ड्याक राखण दिवपी कर्ट्टें.

breath (n) स्वास-उस्वास; दम; **breathe** (v) स्वास-उस्वास घेवप; हळव आवाजात सांगप; • **breathless** (adj) दम वा धांप लागिल्लो; घुसमटलेलो; □ स्वास-उस्वास बंद पडला अशो; मेल्लो; • **blockage of breathing while crying:** आळास परतप; • **breathtaking** (adj) विस्मितांचो; अजापान चकासूर करपी.

breed (v) (प्राणी) जल्माक हाडप; • (n) प्रजा, मतत, जात, नस (प्राण्यांची) • **breeding** (n) देख; देखदिणें शिक्षण; • **to breed dogs and sell them as pets** पिलांगसत (विकपाखातीर वी) प्राणी पोसप.

breeze (n) वाऱ्याची झुळूक; वाऱ्याचें लहानशें लहर; **cool breeze:** शितळ वारें; • **breezy** (adj) शितळ; प्रसन्न (वातावरण).

brethren (n) भावणां.

breviary (n) प्रार्थनेची पटी; स्तोत्राची पटी.

brevity (n) अल्पताय; सार; संक्षेप.

brew (n) फुगोवन आंबटायल्लो जिनस; • (v) मुंगेपाक दवरप; (सोऱ्याची) भाटी गाळप; बीयर तयार करप; □ शिजोवप; □ कूट शिजप, शिजोवप; • **brewery** (n) बीयर उत्पादनाचो कारखानो.

bribe (n) लाच; हात-भिजोवणी; खावड; • (v) लाच दिवप; काम करून घेवपाखातीर अडेचे पयशे दिवप; हात भिजोवप.

brick (n) वीट; तिजुलो; □ मणकुटो; ठोकळो; • **brickmaker** (n) विटो करपी; • **brickbat** (n) (मोखून मारल्क) विटेचो कुडको; अपमानाचें उतर;

• **bricklayer (n)** गंवडी.

bride (n) होंकल; **bridegroom (n)** न्हवरो; • **bridal (adj)** लग्नाचो; काजाराचो.

bridge (n) पूल; साकव; पाटो; □ दोन अंतरां जोडपी साधन; □ इस्पिकांचो एक खेळ.

bridle (n) कासरो; लगाम; □ आडवण; • **(v)** कासरो बांदप; □ आटापा हाडप; □ सांवरप.

brief (n) वकिलाचें टांचण (न्यायालयांत वापरचेलें); • **(adj)** इल्लो; थोडो; ल्हान; मोटवो; • **briefcase (n)** कागदपत्रांचें बॅग; • **briefs (n)** चड्डी.

brigade (n) फौजेचो पंगड; □ खाशेल्या वावरापासत घडिल्लो वावुरप्यांचो पंगड; • **brigadier (n)** दलप्रमुख; पंगड-मुखेली.

brigand (n) वाटमारो; वाटेर लुटपी.

bright (adj) उजळ; चकचकीत; झगझगीत; परजळीत; लकलकीत; □ कीर्तवंत; □ बुदवंत; • **brighten (v)** उजळ करप; परजळावप.

brilliance (n) तेज; हुशारी; गूण; बुदवंतकाय; • **brilliant (adj)** हुशार; तेजवंत; बुदवंत; □ चकचकीत; लकलकीत.

brim (n) कांठ; कड; देग; • **(v)** उप्पट भरप; • **brimful (adj)** उप्पट; तुडुंब.

brine (n) मिठा-उदक; खारें उदक; • **brinepan (n)** मिठा-कुणगी; • **briny (adj)** खार.

bring (v) हाडप; (कितेंय) वचून हाडप; मुखार हाडप; □ सादर करप.

brinjal (n) वांयगें.

brink (n) कांठ; देग; धड; निमाणें तोंक.

brio (n) उर्जा; उमेद.

brisk (adj) (वावराक) सुड्सुडीत; झरझरीत; हुशार.

bristles (n) (ब्रशाचे बी) दाटसार केंस; व्हीर; • **bristle (v)** आंगार कांटो फुलप (रागान बी).

brittle (adj) टणक पूण खळ्ळ् करून फुटपी (कंवची).

broach (v) एकादऱ्या विशयार चर्चा करप; □ उगडून वापरूंक लागप (बल्ल बी).

broad (adj) रुंद; मोटें; व्हडलें □ (मनान) व्हड; उदार; • **broad-minded (adj)** दुसऱ्याचे विचार पटनात आसले तरी समजून घेवपी; • **broaden (v)** रुंदावप; रुंद करप.

broadcast (v) (रेडियो, दूरदर्शनावयल्यान बी) वितरावप; सादर करप; • **(n)** प्रक्षेपण; वितरावणी; • **broadcasting station (n)** प्रेषण केंद्र; वितरावणी केंद्र.

brocade (n) जरीचें लुगट; लुगटावयलें जरीचें काम.

brochure (n) म्हायतीपत्रक; पुस्तिका.

brocket (n) दोनेक वर्सांचो मेरवाचो पेटो.

broil (v) (मांस बी) उकडप; उज्यार भाजप; □ वतांत तापोवप; हून करप; • **broiler (n)** (घो) ब्रॉयलर; कोंबी (मांसाखातीर).

broken (adj) फुटिल्लो; फोडिल्लो; मोडिल्लो; वेरेल्लो; □ गळसणलेलो; धंद्यांत पुराय मार खाला असो; दिवाळें काडलां असो.

broker (n) धंद्यांतलो दलाल; मदेस्त; □ शॅरांचो धंदो करपी; • **brokerage (n)** दलाली; वाटाव.

bronchitis (n) (घो) ब्रॉंकायटीस; स्वास-उस्वास कठीण करपी पिडा;

स्वासनळयेची सूज.

bronze (n) कांशें.

brooch (n) साडयेपीन.

brood (n) एकाच वितायी पिलावळ; • **(v)** खाणा बसप (कोंबयेचें बी); □ चिंतेस्त जावन विचार करप; जावन गेलां ताचेर येवजीत रावप.

brook (n) लहान व्हाळ; व्हाळी; • **(v)** सोंसप.

broom (n) सारण; सात्र; झाडू.

broth (n) कसाय; सार; □ सूप; कान्द.

brother (n) भाव; □ धर्मसस्थेचो वांगडी (क्रिस्तांवांत); • **brotherhood (n)** भावकी; इश्टागत; • **brother-in-law (n)** भावोजी (भयणीचो घोव); मेवणो (बायलेचो भाव); देर (घोवाचो भाव); नंडावो (नंडेचो घोव); साडू (मेवणेचो घोव); • **brotherly (adj)** भावाभाशेन; भावकेचो; मोगाचो.

brow (n) कपल; □ दोंगाचें उबें पातसण.

browbeat (v) नदरेन भेशटावप; उतरांनी उजरावप; वायट वागोवप.

brown (adj) पुडी रंगाचो; वतान तांबसार जाल्लो; • **(n)** पुडी रंग; कमायल्ल्या चामड्याचो रंग.

browse (v) चरप; खंय करप; खरवाची खावड घालप; □ पुस्तक वयलेवयर चाळप; वाचप.

bruise (n) माराचो तांबडो वळ; मोनो मार; • **(v)** मोनो मार लागप; मारान कात तांबडी-निळी जावप.

bruit (n) हूल; वदंता; फाकाय; • **(v)** फां-फां जावप; येत्या-वत्याक सांगप.

brunt (n) धपक्याचो भेट; भार; मारो; उमाळो; ओग; • **bear the brunt of** (धपक्याची) दूख सोंसप; (भाराचें) वजन पेलप.

brush (n) ब्रश; पिशोल; □ कुंची; □ मतभेद; लटाफट; • **(v)** ब्रशान निवळ करप, खरवडप, घांसप बी.

brushwood (n) झिलां; झोपां; कांटयो; झिरकुटां.

brusque (adj) (उलोवपांत बी) तुसडो; तोंडून उलोवपी; फटकून उलोवपी, वागपी.

brute (adj) जनावर कसो (मनीस); रानवट; सभावान जंगली; क्रूर; चिंतप नाशिल्लो; मूर्ख; • **brutal (adj)** जनावर कसो; जंगली.

bubble (n) बुडबुड आवाज; बुडबुडो; (शाब्बाचो) बोमाडो; (सपनांचो) बोमाडो; • **(v)** (रागाचो) ओतो येवप; रागान सळसळप; □ उदकाक बोमाडे येवप; बुडबुड आवाज करप.

buccaneer (n) दर्यांतल्लीं तारवां आडावन लुटपी; चांचो; दर्यांतलो लुटमारे.

buck (n) (अमेरिकेंत) डॉलर; □ जनावरांतलो नर; • **(v)** घोड्याभाशेन उडक्यो मारप; फाटीर बशिल्ल्याक सकयल उडोवप.

buck up (int) शाब्बास ! वच फुडें !

bucket (n) बालदी.

buckle (n) बकल; पटो बी आंवळून बादपाचे साधन (क्लीप); बुटावयली सोंबेची पीन; • **(v)** (चेपणाखाला) बाग घेवप; बागोवप.

buckram (n) खळीचें खरखरीत लुगट; □ कडकसाण.

bucolic (adj) खेड्यांतलो; गांवगिरे; गांवठी; • **(n)** धनगरांचें गीत.

bud (n) कोंब; कळो; बोण; बोंगो; • **(v)** गार्फ लावप; □ वयर सरप; वाडप.

budge (v) हय न्हयसो (लेगीत) हालप (ना); आपल्या मताक घट दसून रावप.

budget (n) अदमासपत्र; दुडवांची येणावळ आनी खर्चाचो अदमास दाखोवपी नियाळ वा म्हायती पत्र; अर्थ-संकल्प.

buff (n) म्हसरांचें कमायल्लें चामडें; • **(v)** धातू चकचकीत करप.

buffalo (n) म्हस; रेडो.

buffet (n) आपापणें घेवपापासत मेजार मांडिल्लें खाण-जेवण; □ फळार; □ थापट वा मुठीचो धपको; • **(v)** थापटांनी बी मारप.

buffoon (n) विचापात्र; मूर्खपणाक लागून हांशाचो विशय जाल्ली व्यक्ती; • **buffoonery (n)** फकाणां; तावल्यो-बावल्यो.

bug (n) भिकूण; बारीक जीव.

buggy (n) (घो) बग्गी; घोड्यांगाडी; लोकांक बसपाची बैलांगाडी; सारवट; धमणी.

bugle (n) शींग; तुतारी; • **bugler (n)** शींग वाजोवपी.

build (v) (बांदावळ) बांदप; घडप; निर्माण करप; • **build a house:** घर बांदप; • **(n)** जायेस; रचणूक; घडण; • **builder (n)** बिल्डर; घरां, इमारती बी बांदून दिवपाचो वेवसाय करपी; • **building (n)** इमारत; भवन; व्हड घर; वास्तू.

bulb (n) (घो) बल्ब; विजेचो बी दिवो; □ कंदमूळ; कांदो बी.

bulge (n) उबारी; सूज.

bulky (adj) हिसपाभायर मोटो; व्हरूंक बी अवघड असो.

bull (n) पाडो; बैल; □ हती, गवो बी व्हड जनावरां; □ तेजीचो सट्टो खेळपी; □ पापसायबांचें फर्मान; □ सामकें पचपचीत उलोवप; • **(adj)** बैलाभाशेन (जायेस); • **bull-headed (adj)** मठ्ठ; हटी; • **Bull (n)** वृषभ रास.

bulldog (n) व्हड मुस्कटाचे जातीचो सुणो; □ धाडशी मनीस.

bulldozer (n) भूंय एकतळ करचेलो ट्रॅक्टर.

bullet (n) आर्माची गुळी.

bulletin (n) संस्थेचें नेमाळें; सरकारी कळोवणी-पत्र.

bullion (n) भांगर, रुपें (धातूच्या रुपांत).

bullock (n) बैल; **bullock cart (n)** बैलांगाडी.

bully (n) गुंड; दुर्बळांक पिडपी; दादा (मवाली); • **(v)** फाटीक लागप; सतावप.

bullwark (n) किल्ल्याचें, कोटाचें दुरीग; □ हड्ड्याचें कोट करून केल्ली राखण; □ बोटीच्या डॅकाचो कांठ.

bumble (v) कशाकशें उलोवप; लक्ष दिनासतना काम करप; लकलकत वचप.

bump (v) आपटप; • **(n)** आपटल्ल्याचो आवाज; आपटून आयिल्लें धोंग; **road full of bumps** धोंगां-पोंगांचो रस्तो; • **bumper (n)** मोटारीक फुडें आनी फाटल्यान आसता ती (धपको बसल्यार सोंसून घेवपाक) आडवी कांब; □ पेल्लाची उसळी; □ उपाट भरिल्लो पेलो; • **(adj)** चकचयाळ; • **bumper crop (n)** खूप मोट्या प्रमाणांत आयिल्लें पीक; • **bumper lottery (n)** खूब मोटें इनाम आशिल्ली सोर्त.

bumpkin (n) हेंगाडी, अन्नाडी मनीस.

bun (n) गोड पाव; बनपाव; □ केंसांचो आंबाडो; बुचडो.

bunch (n) घड, फेणो (केळ्यांचो); पेंड (नाल्लांची); शिपटें, कातरो (बेड्यांचो); घोंस (दाकूंचो); तुरो, झेलो (फुलांचो); घोंस (चावयांचो).

bund (n) बांद.

bundle (n) बंडल; एकठांय बांदिल्ल्यो

वस्तू; (पुस्तकांचें) बाड; (हांतरुणाचो) कवळो; (पत्रावळींचो) पेळो; (खावच्या-पानांची) मोवळी; (शिरत्यांचो) वेडो; (लाकडांचो) भरो.

bung (n) गुड्डी; बूच; गुड्डो.

bungalow (n) बंगलो.

bungle (v) (काम) कशाकशें करप; घुसपागोंदळ करप; घोंसोळ घालप; वेटी-वावर करप.

bunk (n) वणटीक बसयल्ले निद्रपाचें फळें.

bunker (n) सैन्यान झुजपाखातीर जमनींत मारिल्लो चर; बोटींत कोळसो दवरतात ती सुवात.

bunkum (n) पोकी बडबड; भरभर.

bunny (n) (भुरग्याचे भाशेंत) सोसो.

bunting (n) बावटे करपाचें कापड; □ बावटे; घुडयो; तोरणां.

buoy (n) तारवांक वाट दाखोवक दर्यात उफेत दवरलेली खूण; • **(v)** वस्त उफेत दवरप; • **buoyancy (n)** उदकांत वा वाऱ्यार उफेवपाची ताक; • **buoyant (adj)** सामको ल्हव, बुडना असो; उफेवपी; □ प्रसन्न; हांसत्या मुखामळाचो, उमेदी.

burble (v) गू-गू आवाज करप; गुणगुणप.

burden (n) भार; वजे; सोंसूक नजो असो ताण; • **(v)** भार घालप; ताण घालप, खर्चाक मारप; (भुरग्याचेर पुस्तकांचो) भार घालप; • **burdensome (adj)** त्रासांचें; ताण; ताप दिवपी.

bureaucracy (n) नोकरशाय; प्रशासन; • **bureaucrat (n)** प्रशासनांतलो अधिकारी, नोकर; □ कामापरस नेमाचेर बोट दवरून चलपी.

burgeon (v) घसघशीत वाडप; पसोवप; तरतरप.

burglar (n) घरफोडो; घरां, पसरे बी फोडून चोरयो करपी; • **burglary (n)** घरफोडी; चोरी.

burial (n) निखिपणी; दफनविधी; प्रेत पुरपाची क्रिया; • **bury (v)** पुरप; मातयेक लावप; निखिपप.

burly (adj) आंगापांगान दांडगो; लांब-रुंद.

burn (v) उजो घालप वा लागप; लासप; हुलपावप; हुलपप; • **burner (n)** (घो) बर्नर; • स्टोचें, दिव्याचें, चिमणेचें करमल; • **burning sensation (n)** भगभग; चरचर.

burnish (v) घांसून चकचकीत, तिकतिकीत करप.

burrow (n) सोंशाचें बीळ; धोल; • **(v)** खणून बीळ करप.

burst (n) स्फोट; फार; • **(v)** घुसमटमार सोंसना जावन फुटप; स्फोट जावप.

bus (n) बस; येरादारीचें वाहन.

bush (n) झील; झोप; गल्ल; □ केसांचें मालें; □ यंत्राची चाकी.

business (n) व्यापार; धंदो; वेवसाय; □ लागणूक; □ काम; □ करूक घेतिल्लो वावर; • **businesslike (adj)** वेव्हारी; व्यापारापुरतो; थारायिल्ल्या कामापुरतो; • **businessman (n)** व्यापारी; □ **businesswoman (n)** व्यापार वेवसाय करपी बायल.

bust (n) बायलमनशेंची तकली, खांदे आनी छाती; □ मनशाची तकली आनी भुजांमेरेनचो पुतळो; अर्दपुतळो.

bustard (n) एक व्हड जायेसाचें शेवणें.

bustle (n) घोंसोळ; गोंदळ; बोबाट; ताकतीक; गडबड.

busy (adj) कामांत आशिल्लो; वावरांत गुल्ल; जाका फुरसत ना असो.

busybody (n) उचापती करपी मनीस;

दुसऱ्याच्या वेव्हारांत नाक घालपी व्यक्ती.

but (conj) परंत; पुणून; पूण; □ (adv) फकत; मात; निखटो; (prep) खेरीत; सोडून.

butane (n) उज्याखातीर वापरचेलो गॅस.

butcher (n) खाटीक; गोरवां, बोकडां बी मारून मांस विकपी; • (adj) दयामाया नाशिल्लो; • (v) गोरवां मांसाखातीर मारप; □ चांचावन मारप.

butler (n) तारवावयलो कोठयेकार; बोटलेर; तारवटी.

butt (n) विडयेचें, सिगाराचें पोंतेर; □ बडयेची वा रोताची मूठ.

butter (n) (घो) बटर; लोणी; • (v) लोणी लावप; □ काम सादोवप; दुसऱ्याक व्हड करप; सायबाजात्रा करप; • **buttermilk** (n) ताक.

butterfly (n) पाखो; पिसोळें; फुलपाकुलें.

buttocks (n) कुले.

button (n) बटण; बुतांव; विजेची कळ (बटन); □ एक फूल; • **buttonhole** (n) काज; □ ज्युदयेक लायिल्लें फूल; • (v) गजालींपासत वाटेर कोणाकूय धरप.

buttress (n) वणटीक भायल्यान दिल्लो तेंको; • (v) तेंको दिवप.

buxom (n) घसघशीत दोळ्यांत भरपी बायलमनीस.

buy (v) विकतो घेवप; खरेदी करप; • (n) खरेदी; • **buyer** (n) वस्त विकती घेवपी; खरेदी करपी.

buzz (n) बोंग्याचो आवाज; विमान वा यंत्राचो घरघर; □ घुंगुल्ल्यांचो आवाज; □ गजर; • **buzzer** (n) गजर करपी उपकरण.

bygones (n) फाटल्यो गजाली.

by-election (n) मदल्या काळांतली वेंचणूक; पोट-वेंचणूक.

by-lane (n) पायण; पांयवाट; गल्ली.

by-law (n) पोट-कायदो; पोट-नेम.

bypass (n) गांवाभायल्यान वता तो मुखेल रस्तो; • (v) कडसरावप.

by-product (n) मुखेल उत्पादनाखेरीज जाल्लें वेगळें उत्पादन.

bystander (n) रस्त्यावयली घडणूक पळयत उबो रावपी; बघो.

byword (n) संवकळीची म्हण; तोंडांत घोळपी ओपार. ●

C c

C c रोमी अक्षरमाळेचें तिसरें अक्षर.

cab (n) (घो) टॅक्सी; भाड्याची मोटार; घोड्यागाडी; □ ट्रकांत, बसींत, रेलगाडयेंत बी ड्रायवर बसता तो खण; • **cabby (n)** टॅक्सी चलोवपी.

cabal (n) कूट; कारस्थान; गुड्डुलसांव.

cabaret (n) हॉटेलांतली नाचपाची कार्यावळ.

cabbage (n) एक भाजी; कोब; □ इत्माशक्त वा वानसा वगड्यावन बशिल्लो मनीस.

cabin (n) तत्पुरती बांदिल्ली कूड; कोठी; घुमटी; कचेरीतली सायबाची कूड; बोट वा विमानांतली प्रवाशाखातीर कूड.

cabinet (n) (घो) कॅबिनेट; मंत्रीमंडळ; □ कूड; □ शोकेस; आरमार; कपाट; खणांची पेट.

cable (n) (घो) केबल; वीज, तार, टेलिफोन हांचेपासत वापरतात ती दाट सरी; • **(v)** दर्यापोंदच्यान तार-संदेश धाडप; • **cablegram (n)** दर्यापोंदच्यान धाडिल्लो तार-संदेश.

cacao (n) कोको झाड; ह्या झाडाच्यो बियो (कोको, चॉकलेट बी करपाच्यो).

cache (n) मोलादीक जिनस; □ खावच्यो वस्तू लिपोवन दवरुपाची वाटेवयली सुवात (आदल्या काळच्या भोंवडेकारांची).

cackle (n) कोंबयांचें वा बक्यांचें बी कोंकारप; □ उलोवपाचो वा हांशाचो खळखळ.

cacophony (n) किरकिरो, किणो आवाज; बेसूर आवाज; कर्कश आवाज.

cactus (n) (घो) कॅक्टस; निवलांची एक जात; कांट्यांची वनस्पत.

cad (n) असभ्य मनीस.

cadaver (n) जीव नाशिल्ली कूड; प्रेत; मर्डे.

caddy (n) च्याचो पालो दवरपाचें फोलीण.

cadence (n) ताल-सुरांची चडटी-दैवती; आरोह-अवरोह; गाण्याची तान.

cadet (n) लस्करांत वा पोलीस दळांत शिकप घेवपी विद्यार्थी; सेनाछात्र.

cadge (v) पयशे मागप; पयशे मागत भोंवप; • **(n)** भीकमागो.

cadre (n) (नोकरी करतल्यांचो) मुळावो पंगड जो वाडत वता; □ (कट्टरवादी) वावुरप्यांचो पंगड; वर्गण.

Caesar (n) आदल्या रोमन पातशायचें विरुद; □ हुकूमशहा.

Caesarian (adj) शस्त्रक्रियेन केल्लो (बायंटेर); (ज्युलीयस सिझराचोय जल्म शस्त्रक्रियेन जाल्लो देखून.)

cafeteria (n) नाबीचेरूच च्या फळार घेवपाचें हॉटेल.

caffeine (n) च्या आनी काफयेंत आसपी एक पदार्थ (जो तांचें व्यसन लायता).

cage (n) पांदरो; मानस; • **(v)** पांदऱ्यांत बंद करप.

caisson (n) दर्यांत भितर कितेंय बांदूंक घेवचेपयलीं धंय उदक वचचें न्हय म्हण केल्ली मांडावळ.

cajole (v) गोड उलोवन भुलोवप वा फटोवप; फुलां माळप; चण्या झाडार चडोवप; काम करून घेवप.

cake (n) (घो) केक; □ कसलेंय काप; • **cakes of rice flour (n)** सान्नां; हीट.

calamity (n) अरिश्ट; विघ्न; संकश्ट; अनर्थ; अपसरण.

calcium (n) (घो) कॅलशीयम; चुनो.

calculate (v) अदमास काडप; सुमार करप; गणीत करप; गणटी करप; हिशोब करप; □ फाटलें-फुडलें येवजप; • **calculating (adj)** हिसबी; सुवार्थी; धूर्त; आंखून काम करपी; • **calculation (n)** अदमास; गणीत; गणटी; • **calculator (n)** (घो) कॅलकुलेटर; गणीत करपाचें ल्हान उपकरण; • **calculus (n)** गणिताचो एक खास प्रकार.

calendar (n) (घो) कॅलेंडर; वर्स, म्हयनो, तारीख, तीथ, सण, परब हांचेविशीं म्हायती दिवपी वणटी-पत्र; पंचांग; □ जंत्री; वळेरी.

calf (n) (गायचें, हतयाचें, मेरवाचें बी) पील; □ वासरूं; पाडूक; □ (पांयाची) पोवठ.

calibre (n) तुबकाचे नळयेचो भितल्लो घेर; गर्बी; तुबकाचे गुळयेचो घेर; □ पोत; विरी; □ तांक; म्हत्व; पात्रताय.

calico (n) एक सुती लुगट.

call (n) आपोवणो; उलो; भेट; □ देशाचो उलो; अमकेंच कर्तव्य कर म्हण सांगपी मनांतलो उलो; □ फोनावयलें उलोवप; • **(v)** आपोवप; उलो मारप; भेट दिवप; □ फोन करप; • **caller (n)** मेळूंक येवपी; □ फोन करपी; • **calling (n)** उद्देगधंदो; वेवसाय; □ लागणुकेची जाणवीक; लागणूक करूंक मनांत आयकल्लो उलो.

calligraphy (n) सोबीत हातबरप; हातबरपाची कला.

callous (adj) निगरगट्ट; निड्डुकी; निर्दय; निसूक; क्रूर.

callow (adj) अणभव नाशिल्लो; पांखां फुटूंक नाशिल्लो; पोरांटो.

calm (n) शांत वातावरण; किण्ण; • **(adj)** सभावान निर्भीड; शांत; थीर; थंड; • **calmness (n)** शांती; मनाची थिराय; सवस्तकाय; • **calmly (adv)** थंडपणान; चित्ताची शांती इबाडिनासतना.

calorie (n) ताप दाखोवपी माप; □ अन्नापासून कुडीक जी शक्ती मेळटा तिचें माप; • **calorimeter (n)** हुनसाण, ताप, ऊब बी मेजपी उपकरण.

calumniate (v) दुसऱ्याचेर बगलांट घालप; दुसऱ्याचें वायट उलोवप; निंदा करप; • **calumny (n)** बगलांट; बदनामी; निंदा.

calve (v) वियेवप.

camaraderie (n) इश्टागत; सांगात; आपसांतलो विस्वास.

cambric (n) मलमल; एक पातळ सुती लुगट.

camel (n) कर्रे; उंट.

camera (n) (घो) कॅमेरा; फोटो काडचेलें यंत्र; □ न्यायाधिशाची बी बसपाची कूड; • **cameraman (n)** सिनेमा वा दूरदर्शन चित्रण करपी; फोटो काडपी; • **in camera**

= गुप्त रितीन; बंद कुर्डीत (कोर्टाचें काम चलोवप).

camouflage (n) दुस्मानाक फटोवचेली मांडणी; मायावरण; • **(v)** खऱ्या बदला भलतेंच दाखोवन सत्याचो आभास करप.

camp (n) तंबू बांदिल्लें मळ; सैन्याचो राबितो वा तळ; □ बंदिस्तांक दवरपाची सुवात; कसल्याय कामापासत तत्पुरती रावतिका; • **scouts' camp** बालवीराची तत्पुरती रावतिका; • **(v)** तंबू घालून रावप; तत्पुरती रावतिका करप.

campaign (n) मोहीम; अभियान; प्रचार; चळवळ.

camphor (n) कापूर.

campus (n) कॉलेज वा युनिवर्सिटीचें प्रांगण.

can (n) (घो) कॅन; फोलीण; • **(v)** फोलिणांत जिनस भरप.

canal (n) (घो) कानाल; पाट; व्हाळी; खारीज; • **small canal in the field (n)** जवळी; • **canalize (v)** पाट वा खारीज बांदप; जाय ती वाट करून दिवप; (वावर) फावो ते दिशेन वचूंक मांडणी करप.

canard (n) फटीची हूल; नसती फाकाय; विपर्यस्त खबर.

canary (n) गाड; हळडुवो रंग; □ एक हळडुव्या पांखांचें गावपी सुकणें.

cancel (v) आखिल्ली मांडावळ वा कार्यावळ रद्द करप; केल्लें फाटी घेवप; चलता तें मना करप; (मारिल्लो छाप) नूल करप; (थारायिल्ल्यो कार्यावळी) बंद दवरप.

Cancer (n) कर्क रास; • **cancer (n)** (घो) कॅन्सर; कांक्र; चाळणपुळी; • मनशाक लागिल्लें गिराण (वायट स्थिती).

candid (adj) मेकळ्या मनाचो; कपट नाशिल्लो; स्पश्ट उलोवपी.

candidate (n) (वेंचणूक, नोकरी, पुरस्कार हांचेखातीर) उमेदवार; परिक्षार्थी; पदाभिलाषी.

candle (n) दिवो; वात; मेणवात.

candour (n) मेकळेपण; सादेपण; सरळ सभाव; इमानदारी.

candy (n) कॅंडी; साकरेची वडी वा बावली बी.

cane (n) बागोवं येता तसली बडी; वेत; रोत; लाठी; □ उशिकाडो; • **(v)** वेतान मारप; • **cane charge (n)** पोलिसांचे लाठयेन मारप; (घो) लाठीचार्ज.

canine (adj) सुण्यासंबंदीत; • **canine tooth (n)** सुण्याचो दांत (सुळो कसो).

canji (n) पेज; • **canji water (n)** निवळ; • **best boiled canji (n)** फुलार पेज.

canker (n) मनशाच्या तोंडाक, घोड्याच्या गेतांक, फळझाडाक बी जावपी एक रोग; □ कोरांतून खावपी रोग; □ एक कीड; • **(v)** इबाडप; कुसप; गळप.

cannery (n) तरेकवार जिनस भरिल्लीं फोलिणां हवाबंद करपी कारखानो; फोलिणांचो कारखानो.

cannibal (adj) मनशाचें मांस खावपी; स्वजातभक्षी.

cannon (n) नाळ; तोफ; • **cannonnade (n)** नाळी-गुळ्याचो खर मारो; फारार फार.

canny (adj) (व्यापार धंद्यांत) शिटूक; वेव्हारी; फाटलें फुडलें येवजुपी; शाणो.

canoe (n) पनेळ; ल्हान होडें.

canon (n) क्रिस्ती धर्मशास्त्राचो नेम; क्रिस्ती धर्मग्रंथावळ; • **canonize (v)** (अमकोच) संत म्हण इगर्जेन मान्यताय दिवप; संतांचे वळेरेंत इगर्जेन नांव आसपावन

घेवप.

canopy (n) शिंवासनावयली सत्री; □ पलंगाचो सुदर्शेव; □ ल्हान माटव; ल्हान पांखें.

canorous (adj) आयकूंक गोड; कानाक म्होंवाळ.

cant (n) साकरेंत घोळयल्लीं उतरां; मनांत एक भायर एक अशें उलोवणें; □ पत्रकार; वकील हांची तांची तांकांच समजुचेली बोली; चोरांच्या पंगडाचीय खाशेली बोली.

cantankerous (adj) तिरबट; झगडूंक फुरफुरपी; रोखडोच तापपी; झगडाळ (बायल); झोड.

canteen (n) कैंटीन; कारखाने, विद्यालयां, कचेऱ्यो हांचीं स्वताचीं हॉटेलां जंय वस्तू नियंत्रीत दरांत मेळटात.

canter (n) घोड्यान सवकासायेन मारिल्ली टाप; फुडले तशे फाटले पांय उबारून घोड्याचें सवकास धांवप.

canticle (n) इगर्जीनी वाचतात तो धर्मग्रंथांतलो उतारो; स्तोत्र.

canto (n) काव्याचो सर्ग.

canton (n) प्रांत.

cantonment (n) लस्कराची रावतिका; लस्कराचें ठाणें; छावणी; जंय लस्कराचे लोक रावतात तो वाटार.

canvas (n) (घो) कॅनवास; किंतान; ताग; दाट जोगडें लुगट; □ तारवाचीं शिडां; □ ऑयल पेंटापासत वापरतात तें लुगट; ऑयल पेंटाचें चित्र; • **(v)** प्रचार करप; □ मतां मागूंक वा म्हाल खपोवंक दारादारार भोंवप.

cap (n) तोपी; तोपरें; कांय खाशेलीं कामां करतलो लोक वापरतात तीं माथ्याचीं कॅपां (नर्स, पोलीस बी); □ कित्याचेंय धांपणें; पॅनाचें बी बुकाल.

capable (adj) कर्तुबी; शकमी; योग्यताय आशिल्लो; • **capability (n)** योग्यताय; पात्रताय; शक्त; त्राण; कुवेत; कपशी.

capacious (adj) आयस-पयस; जातूंत जायतें आसपावं येता असो (जागो).

capacity (n) आसपावन घेवपाची तांक; पोटी; पात्रताय; कपशी.

caparison (n) घोड्याचे वा हतयाचे फाटीर मांडिल्ली बसका.

cape (n) न्हंय वा दर्यांत गेल्लें भुंयेचें तोंक; भुंयशीर.

caper (v) उडकी मारप; नाचप.

capillary (adj) केंसांसंबंदीत; केंस कसो; बारीक; किडकिडीत • **(n)** सामकी बारीक गर्बेची नळी; केंसाभाशेन नळी; केंसर-नळी.

capital (n) राजपाटण; राजधानी; □ भांडवल; व्यापारांत घाल्ली मूळ रक्कम; □ सांठयल्ली पुंजी; □ रोमन अक्षरमाळेंतलें व्हडले लिपयेंतलें अक्षर; □ खांब्याचो माथो; • **(adj)** मुखेल; चड म्हत्वाचो; बेस बरो; • **capital offence (n)** मरणाची ख्यास्त फर्मावपाचो गुन्याव; • **capital punishment (n)** मृत्युदंड; मरणाची ख्यास्त.

capitalism (n) भांडवलशाय; • **capitalist (n)** भांडवलदार; सावकार; • **capitalize (v)** फायदो घेवप; भांडवल करप.

capitation (n) दर व्यक्तीन फारीक करपाची पटी; • **capitation fee (n)** विद्यालयांत प्रवेश मेळोवंक फारीक करचेली अवांतर पटी;.

capitulate (v) शरण येवप, वचप; पांयांर घालून घेवप; आत्मसमर्पण करप.

caprice (n) कोल्ल; विक्षिप्तपण; • **capricious (adj)** कोल्ली; कसो वागत तें सांगूं येना असो; अस्थीर चित्ताचो.

Capricorn (n) मकर रास.

capsize (v) होडें उदकांत उमथप.

capsule (n) कॅपसूल; तावज कशी वखदाची गुळी; बॉंड; □ अंतराळयानाचो वेगळावंक येवपी भाग.

captain (n) (घो) कॅप्टन; कपीत; खेळा-पंगडाचो मुखेली; □ तांडेल; □ भूंयदल, वायूदल, दर्यादल हांचो एक वरिश्ठ अधिकारी.

caption (n) माथाळो; चित्र, लेख वा प्रकरणाचें शिर्शक.

captious (adj) बारीक बारीक नोतां काडपी; तरे धरपी; खोडी काडपी; छिद्रान्वेषी.

captivate (v) ओढ लावप; गुल्ल करप; भूल घालप.

captive (adj) झुजांत धरिल्लो; एके सुवातेर बंदी म्हणून दवरलेलो; □ वश जाल्लो; गुल्ल जाल्लो; • (n) बंदी; • **captor** (n) मनशाक धरपी; धरून बंदखणींत घालपी; • **capture** (v) मनशाक धरप; अपहरण करप; बंदिस्त करप; ताब्यांत घेवप; □ लुटप; □ जशाक तशें टिपप (चित्र वी) • (n) अपहरण.

car (n) (घो) कार; मोटार; धांवतें; □ रेल्वेचो खास डबो वी (ड्रायनींग कार).

caramel (n) खाणांत वास आनी रंगाखातीर घालपाचो एक जिनस; भाजिल्ली साखर; □ एक चॉकलेट.

carat (n) भांगराचो कस (24 कॅरेट; सुलाखी); खडे, रत्नां वी मेजपाचें माप (200 मि.ग्रा.).

caravan (n) वाळवटावयल्यान वचपी लोकांचो पंगड; □ रावपाची मांडावळ आशिल्ली वड्ड गाडी; • **caravanserai** (n) धर्मसाळ.

carbon (n) (घो) कार्बन; □ काजळी.

carboy (n) (घो) कारबो; व्हड शिसो.

carbuncle (n) केसपुळी; कातीर जाल्लें दुखपी कट्टूल.

carcass (n) जनावराची मेल्ली कूड; □ मांसाखातीर गोरवाचें धड; □ सांगाडो.

card (n) (घो) कार्ड; पोस्टाचें वा आमंत्रणाचें बी कार्ड; □ इस्पीक; □ दाटसार कागद; • **cardboard** (n) पापेलांब; पुठ्ठो; खड्डो.

cardamon, cardamum (n) येळ.

carder of cotton (n) कापूस कांतोवणो.

cardiac (adj) काळजासंबंदीत; • **cardiogram** (n) काळजाचे हालचालीचें यंत्रान टिपिल्लें चित्र; • **cardiograph** (n) काळजाची हालचाल टिपपी यंत्र; • **cardiology** (n) काळजाचे पिडेसंबंदीचें शास्त्र.

care (n) चिंता; जतनाय; जापसालदारकी; राखण; सांबाळ; हुसको; उस्तवारी; • (v) जतनाय घेवप; उस्तवारी काढप; लक्ष दिवप; • **carefree** (adj) चिंता-हुसको नाशिल्लो; जाका कांयच लागना असो; आतमीखुशाल; • **careful** (adj) जतनाय घेवपी; सादर; शिट्टक; चत्रायेन वावुरपी; जोखून काम करपी; • **carefully** (adv) चत्रायेन; जोखून; जापसालदारकेन; अचळय; • **careless** (adj) बेजबाबदार; बेपर्वा; • **caretaker** (n) राखणदार; सांबाळ करपी; जापसालदारकी घेतिल्लो मनीस; • **careworn** (adj) चिंतेन हुसक्यान गळिल्लो; कांचवेल्लो; • **take care** (int) सादर राव! चत्राय!

career (n) वेवसाय; कारकिर्द; कार्यकाळ; उदरगत; • (v) धांवत सुटप; गतीन धांवप; • **careerist** (n) जो आपलेच उदरगतीचें चिंतता असो मनीस; जाका फकत आपल्याच उद्देग-धंद्याचें, नोकरेचें बी पडलां असो मनीस.

caress (v) अपुर्बाय करप; म्हज्यांत घेवप; पोशेवप; सांसपप.

caret (n) बरपांतली ^ अशी कुरू; बरयलां तातूंत नवें आसपावंक घालचेली कुरू; □ कावळ्यादोंको.

cargo (n) बोट वा विमानांतल्यान बी व्हरपाचो जिनस.

caricature (n) मनशाचें व्यंगचित्र; हांसोवपी प्रतीकृती.

caries (n) दांत वा हाडांचो क्षय.

carilla fruit (n) कारथें.

carking (adj) चिंतेंत घालपी; सोंसूंक कठीण असो.

carload (n) गाडीभर सामान.

carnage (n) मनशांची कत्तल; हत्याकांड.

carnal (adj) कुडीसंबंदीत; कुडीच्या लिंगीक गरजांसंबंदीत; भौतीक; ऐहीक.

carnation (n) गुलाबी रंग; □ एक वासाचें फूल.

carnival (n) (घो) कार्निवाल; इंनूज; □ कांय कॅथलीक देसांनी 'लेंण्टा'पयलीं धुमशेणां कांडून सारतात तो काळ; □ भौशीक मौजेची परब.

carnivorous (adj) मांस खावन जियेवपी; मांसभक्षक.

carol (n) क्रिस्तजयंती, नातलां वेळावयलें येवकार गीत; खुशालकायेचें गीत.

carp (n) एक व्हड सावें नुस्तें; • **(v)** तरे धरप; बारीक सारीक गजालींनी खोडी काडप.

carpal (n) मनगटाचें एक हाड.

carpenter (n) थवय; मेस्त; • **carpentry (n)** मेस्तकाम; लाकडासंबंदीत काम (वस्तू करपाचें); **carpenter's lining nail (n)** कळाशी.

carpet (n) जमखण; जाजम; गालिचो.

carriage (n) रेल्वेचो डबो; घोड्यागाडी; □ सामान हाड-व्हर करपाचें भाडें; • **carrier (n)** म्हाल हाड-व्हर करपी मानाय वा भाडेल; गाडी; • **public carrier (n)** (कोणाचोय) म्हाल हाड-व्हर करपाचें भाड्याचें वाहन; भाड्याचो ट्रक बी.

carrion (n) मेल्ल्या जनावराचें कुशिल्लें मांस.

carrot (n) गाजर.

carry (v) (वस्तू) व्हरप; (वस्त) आंगार आसप; (खबरो) पावोवप, पातळावप; (बील) पास जावप; □ उखलून व्हरप; जापसालदारकी पत्करप.

cart (n) हातगाडो; बैलांगाडी; घोड्यांगाडी; • **cartage (n)** गाडीभाडें; • **carter (n)** गाडयेकार; गाडेकार; • **cartwright (n)** गाडे करपी थवय.

carte blanche (n) पुराय अधिकार; जाय तें करूंक दिल्ली मान्यताय.

cartography (n) नकसो काडपाची विद्या.

carton (n) (घो) कार्टन; कास.

cartoon (n) व्यंगचित्र; • **cartoonist (n)** व्यंगचित्रकार.

cartridge (n) (घो) कार्तूश; काडतूस; आर्माची गुळी.

carve (v) (चित्र वा वस्तू करचेखातीर) फातर, लाकूड कांतोवप, कोरांतप; □ जेवतना मांस कातरप (वांटे करपाक); • **carve out (v)** (आपणाखातीर) तजवीज करप; • **carver (n)** लाकूड, फातर कांतोवपी, कोरांतपी मनीस; □ सुरी; • **carving (n)** लाकूड, फातर बी कांतोवन केल्ली सोबीत वस्त.

cascade (n) तळपांचेर पडपी घसघसो; घोगो; वझरो; □ देंवती.

case (n) कास; पेट; चिरी; धांपणें; □ प्रस्न; मुद्दो; घडणूक; विशय; □ कोर्टांतलो

खटलो; □ पिडेस्ताची हाताळणी; □ विभक्ती; • **case history (n)** व्यक्ती इतिहास; पिडेस्ताचे भलायकेचो इतिहास; □ घडणुके फाटलो इतिहास; • **casing (n)** कट्टें; कास; धांपणें.

casement (n) दाराभाशेन उकतें करपाचें जनेल.

cash (n) रोख; रोखड; नगद दुडु; • **cash crop (n)** नगदी पीक; • **cashier** (धो) कैशर; कंपनींतलो रोख दुडु हाताळपी नोकर.

cashew (n) म्हरटो; काजू; • **raw cashew (n)** तुमण; • **cashew-nut (n)** काजू बी; • **raw cashew-nut (n)** बिबो; • **fried cashew-nut (n)** भाजिल्लो काजू म्होवलो; • **cashew kernel (n)** काजूबियेचें कल्ल; • **cashew kernel oil (n)** काजल; • **cashew tree (n)** काज.

casino (n) दुडवाच्या खेळाचें सरकारमान्य हॉटेल; जुगार-घर.

cask (n) बल्ल; पीप; लाकडाची पेट; □ कट्टें.

casket (n) करण; पेटूल.

casque (n) शिरस्राण.

casserole (n) (धो) कैसरोल; एक रांदपा-वाढपाचें आयदन.

cassock (n) पाद्रीचो लांब काळो चोळो; लोब.

cast (n) नाटकांत, सिनेमांत बी काम करपी कलाकार; कलाकारांचो पंगड; □ आयट; • **(v)** (गरी उदकांत) उडोवप; (उजवाड) घालप; (कात) सोडप; (आयटींत) ओतोवप; (मत) घालप; • **cast iron (n)** बीड.

castaway (adj & n) भायरो केल्लो; जातीभायर घाल्लो; □ परकी देसाचे तडीक लागिल्लो (बोटीच्या अपघाताक लागून).

caste (n) जात; कुळी; • **caste tendency (n)** जातीप्रवृत्ती.

castigate (v) स्यास्त दिवप (उतरांनी वा धपक्यांनी).

casting (n) आयटींत घालून घडयल्ली धातूची वस्त; • **casting vote (n)** निर्णायक मत; दोनूय वटांनी मारकींच मतां पडटात तेन्ना अध्यक्षान घालचेलें मत.

castle (n) किल्लो; कोट; म्हाल; □ बुद्धीबळांतलो हत्ती; • **castles in the air (n)** मनोराज्यां; निर्फळ सपनां; वान्याचीं झाडां.

castor (n) फर्निचराक, बैगाक बी हालावक पोंदा लायतात त्या गाडयांतली एक; • **(n)** एंरड; • **castor oil (n)** एंरडेल.

casual (adj) अचकीत घडिल्लो; आपमूक जाल्लो; योगायोगान मेळिल्लो; □ पर्वा नाशिल्ले भाशेन वागपी; उर्मट; • **casual labour (n)** गरजेपुरतो घेतिल्लो कामगार; • **casual leave (n)** गरजेक लागून घेतिल्ली सुटी.

casualty (n) दुर्घटना; □ जखमी जाल्ल्याक पयली व्हरतात तो हॉस्पिटलाचो विभाग, कक्ष; • **casualties (n)** झुजाचे बळी.

cat (n) माजर; बिलू; □ रानमाजर; • **catty (adj)** आपल्या वाद्याचो; दृश्ट; • **catcalls (n)** हुशयो आनी फीफी करून घाल्ल्यो शिळोप्यो.

cataclysm (n) लोकांक इपर्तींत घालपी भिरांकूळ मोड; म्हान संकश्ट; (भूंयकांप; भयंकर हुंवार; अचकीत पेटिल्लें झूज बी).

catalogue (n) वस्तूंच्या नांवांची जंत्री; पुस्तकांची नामावळ; सुची; म्हायती-पत्रक; कसल्याय जिनसांची म्हायती दिवपी पत्रक;

पुस्तिका.

catalyst (n) मिश्रणाउप्रांत आपूण बदलनासतना दुसरो जिनस बदलपी पदार्थ; □ बदल घडोवन हाडपी मनीस वा पदार्थ.

catamaran (n) सांगड कशें दोट्टी होडें; लाकडां-होंडक्यांचें जंगल (उदकांतल्यान म्हाल हाड-व्हर करपाचें).

catapult (n) गोफीण.

cataract (n) दोळ्यांक पडटा तें फूल; मोतीबिंदू; □ व्हडलो घसघसो; उदकाचो मोटो लोट.

catastrophe (n) सांवार; हाहाक्कार; प्रलय; अचकीत आयिल्लें म्हान संकश्ट; अनर्थ.

catch (v) (जिकून) धरप; (घट) धरप; (फाटीक लागून) सांपडावप; (कितेंय चोरून करतना) धरप; (सुट्टा ती गाडी) धरप; (नदर) ओडप; (उजो) लागप; (गरयेन नुस्तें) धरप; □ कानार सारकें पडप; • **(n)** झेल; जीक; □ धरिल्लें नुस्तें; □ कुडीक येता तो कसकस.

catchment area (n) जंय न्हंयचें, व्हाळाचें बी उदक थारता ती सुवात; उदक पुंजा जावन रावपाचो सकलाटेचो भाग.

catchword (n) पालूपद; लोकांच्या तोंडांत बशिल्लें उतर; भलत्याच अर्थाचें पूण उलयतना तो अर्थ मनांत धरिनासतना उलयल्लें उतर.

catchy (adj) (संगीत)आनंद दिवपी; गोड; मतींत उरसारकें; (चाल) ओंठार घोळोवपासारकी.

catechism (n) देव आनी इगर्ज हांचेविशीं फोडणिशी करपी प्रस्नोत्तरी.

categorical (adj) स्पश्ट; सरळ (निवेदन); अटीविरयत दिवचें केल्लें (फाटबळ).

category (n) कूळ; वर्गण; जात; तरा; □ लायकी; पांवडो.

cater (v) गरजेची पुरवण करप; कार्यावळींनी खाणा-जेवणाची पुरवण करप; • **caterer (n)** समारंभांखातीर खाणा-जेवणाची पुरवण करपी.

caterpillar (n) निकतोच जल्माक आयिल्लो पाखो (जो पांखां फुटनाफुडें उडटा); □ सरपटपी कीड; कुसुंडो; □ रणगाडो; ट्रॅक्टराच्या चक्रांक आसता ती दांतऱ्यांची पट्टी; □ रणगाडो; ट्रॅक्टर.

Cathey (n) चीन देसाचें आद्य तशेंच साहित्यीक नांव.

cathedral (n) क्रिस्ती धर्मपीठ; व्हडली इगर्ज.

catholic (adj) सर्वव्यापी; सगले मनीसकुळयेक लागपी; उदार तसो उजू; • **(n)** रोमन कॅथलीक इगर्जेचो वांगडी.

catnap (n) थोडीशी न्हीद; झेम; लकण.

cat's paw (n) हस्तक; शेरको; पाळवो; □ वाऱ्याच्या झोताक लागून थंड उदकार उठिल्लें ल्हार.

cattle (n) गोरवां; • **cattlefood (n)** गोरवांची खावड; • **dead cattle (n)** ढोर; • **cattle rope (n)** दावें.

caucus (n) राजकी पक्षाच्या कांय वांगड्यांचो गट (कारस्थानी); पक्षाची बसका.

cauldron (n) व्हड खोल कायल; लोखणें (तेल बी सळसळावपाचें).

cauliflower (n) फुलकोबी.

causal (adj) कार्यकारणसंबंदीत.

cause (n) कारण; निमित्त; मूळ; □ हेतू; ध्येय; • **(v)** परिणाम घडोवप; उत्पन्न करप; • **causeless (adj)** कारण नाशिल्लो; ध्येयविरयत; बशिल्लेकडेन आयिल्लें (संकश्ट).

causerie (n) एकादऱ्या साहित्यीक विशयाचेर अनुपचारीक चर्चा.

causeway (n) उदकांतल्यान वा शेतांतल्यान बांदून काडिल्ली वाट; पाटो.

caustic (adj) भगभगावपी; □ (उलोवप) लागता तसलें; तोकासांवांचें; चाबकुरें.

caution (n) चत्राय; जतनाय; शिटकावणी; • (v) शिटकावप; कपलफोडणी करप; • **cautious** (adj) शिटूक; जागरूक; सादर; फाटीफुडें पळोवपी.

cavalcade (n) घोड्यार बशिल्ल्यांची सोबे-भोंवडी; • मोटारींची मिरवणूक; • **cavalier** (n) घोड्यार बशिल्लो शिपाय; घोडेसुवार; हुशार, कपशेचो तरणाटो; बायलांचो आदर करपी मनीस; • (adj) अहंकारी; • **cavalry** (n) घोडदळ; फौजेंतलो घोडेसुवारांचो पंगड.

cave (n) घोल; पोखर; • (v) घोल खणप; घोलींत रावप; • **cave in** (v) कोंचप; भितरलेबटेन कोसळप; □ भागाखाला चेपून वचप; विरोध फाटीं घेवप; शरण वचप; हार मानप; • **cavern** (n) व्हडली काळखी घोल; भुंयार; • **caveman** (n) आदिमनीस; भुंयारांत रावपी आदलो मनीस.

caveat (n) कोर्टान कृती करची न्हय म्हण कायद्याच्या आधारान कोर्टाकडेन केल्लें मागणें; □ शिटकावणी.

cavil (n) वितंडवाद; हुज्जत; • (v) वितंडवाद करप; हुज्जत घालप; तोंडाक लागप.

cavity (n) खांच; खळी; फोंड; फोंडारो; पोखर; बुराक.

caw (n) कावळ्याचें कावकाव; कांय शेवण्यांचें रडप; • (v) कावळ्यान काव काव करप.

cay (n) न्हंयकांठार झिली आनी रेंव मेळून जाल्लो न्हान जुंवो.

cayman, caiman (n) मान्गें (अमेरिकेंतलें).

cease (v) थांबप; थांबोवप; बंद पडप; शेवट करप; • **cease-fire** (n) झूज-बंदी; युद्धविराम; झुजांतलो फार-पेट थांबोवप; • **ceaseless** (adj) थांबनाशिल्लो; विस्रव घेनाशिल्लो; **ceaselessly** (adv) अखंड; लागून; थांबनासतना; विस्रव घेनासतना.

cedar (n) देवदार रूख; एक वासाळ मदेराचो रूख; (ह्या रुखाच्या लाकडापासून लाप्स बी करतात).

cede (v) अधिकार सोडप; सत्ता दुसऱ्या सुवादीन करप; सुपूर्द करप; □ हार मानप.

ceiling (n) फोर (जो घराच्या पाज्टाचे भितल्लेबटेन मारतात); □ पगाराचेर वा वस्तूच्या दराचेर घाल्लो शीम; आस्पत कितली आसची हाचेर घाल्ली शीम; □ मर्याद; मेर; आडावण.

celebrate (v) (परब) मनोवप; (भौशीक) भोवमान करप; खोस परगटावप; • **celebrated** (adj) मानादीक; नामनेचो; फांकिवत; • **celebrity** (n) नामनेची व्यक्ती; जैतवंत मनीस; □ नामना; नांवलोकीक; फांक.

celerity (n) धांव; ताकतीक; नेटाची गती; चपळाय.

celestial (adj) सर्गींचें; सर्गांतलें; देवान दिल्लें; दिव्य; दैवी; □ मळबासंबंदीत; खगोलीय.

celibacy (n) ब्रह्मचर्य; व्रत म्हणून लग्न जायनासतना रावप; • **celibate** (n) ब्रह्मचर्याचें व्रत घेतिल्ली व्यक्ती; आंकवार व्यक्ती.

cell (n) कुटी; कोठी; न्हान कूड; खण; □ बंदखणीची कोठी; □ वावुरप्यांचो खाशेल्या

कामापासत घडिल्लो ल्हान पंगड; □ बॅटरी सॅल; □ मनीस-कुडींतली पेशी; • **cella (n)** गाभारो; • **cellar (n)** तळघर; कोठी.

cellophane (n) भींग कशी पातळ आरपार फोल.

cellular (adj) एकोडी (कूड); एकोड्या खणांची; गाळ्यांची; खणां-खणांची (बंदखण).

celluloid (n) रांदो (हाचेपासून सिनेमाचीं फिल्मां करतात).

cement (n) शिमीट; □ एकचार घडोवपी तत्व; • **(v)** शिमिटान घट करप; सांदोवप; संबंद जोडप.

cemetery (n) (घो) शिमितेर; मेल्ली कूड पुरचेली सुवात; मसंड.

censer (n) धुपाटणें; धुपारत.

censor (n) तपासणी अधिकारी; □ नेमाळीं, पुस्तकां, सिनेमा आदींच्या बरपाची बी तपासणी करपी सरकारी अधिकारी जाका तांचें प्रकाशन आडावपाचो अधिकार आसता; □ बंधन; नियंत्रण; • **censorship (n)** तपासणी; तपासणेचें बंधन; नियंत्रण.

censure (n) खर नापसंती; • **(v)** बोल लावप; उजरावन काडप; दूशण दिवप; • **censure motion (n)** निंदेचो थराव; निंदा प्रस्ताव.

census (n) जनगणना; लोकगणटी; जनावरांची बी मेजणी; येरादारीची नोंद.

cent (n) एक परदेशी नाणें; डॉलराचो शंबरावो वांटो; (संक्षेपान) शेंकडो; • **centenarian (n)** शंबर वर्सां जाल्ली व्यक्ती; • **centenary (n)** शंबरी; शताब्दी; शती; शंबर वर्सांनी येवपी दीस.

centaur (n) ग्रीक पुराणांतलो देव जाका मनशाची तकली आनी हात, आनी घोड्याचें धड आनी पांय आसतात.

centigrade (n) (घो) सँटिग्रेड; अंश सेलसियस; उदकाची गोठेवणी आनी सळसळ हांतल्या अंतराच्या बराबर शंबर वांट्यांतलो एक; • **centimetre (n)** (घो) सँटिमीटर; मीटराचो शंबरावो वांटो.

centipede (n) वागोणी, गोठाणे सारकिलो खूब पांयांचो लांबोडो जीव.

central (adj) मुखेल; मदलो; मदेवर्ती; केंद्रीय; • **centralize (v)** केंद्रीकरण करप; मर्दी हाडप; • **centre, center (n)** केंद्र, मदलो बिंदू; मदली सुवात; □ केंद्र सरकार.

century (n) शंबर वर्सां; □ शेंकडो; शतक; शतमान; □ क्रिकेटींतल्यो शंबर धांवड्यो.

ceramic (n) चिनी माती; चिनी मातयेच्यो वस्तू; • **ceramics (n)** असल्यो वस्तू करपाची कला.

cereal (n) अन्नधान्य; तणापासून जाता तें धान्य (तांदूळ, गंव, नाचणो बी).

celebral (adj) मेंदूसंबंदीत; • **cerebrum (n)** मेंदूचो मुखेल भाग.

ceremony (n) समारंभ; कार्यावळ; दबाजो; सुवाळो; विधी; आक्त; • **ceremonial (adj)** दबाज्याचो; समारंभाचो; □ शिश्टाचाराचो; उपचारीक.

certain (adj) अचूक; खातरेचो; पातयेवपासारको; भरवंशाचो; □ अमको, तमको; फलाणो; • **certainly (adv)** खरोच; खातरीन; भरवंशान; दुबावाविरयत.

certificate (n) (घो) सर्टिफिकेट; दाखलो (विद्यालयाचो, वैजाचो, सरकाराचो बी); प्रमाणपत्र; तोखणाय-पत्र; • **certify (v)** प्रमाणीत करप; खरो म्हणून म्होर मारप; निशाणी करून खरेपण सिद्ध करप.

cess (n) म्हासूल.

cessation (n) थांबप; खळणी; थांबणी; विराम.

cession (n) हकाचो त्याग; सोडवीट.

cesspool (n) घाणयार्रे उदक आनी हळशीक सोडपाचो फोंड वा टांकी; □ कोंड.

chafe (v) कात चरचरप; □ (हात) घांसून हुनसाण हाडप; □ दुखसर घांसप; तिडप; तिड्यवप.

chaff (n) करड; कुंडो; तूस; भुसो; □ कचप; बनावटी वस्त; उपकरनाशिल्ली वस्त.

chagrin (n) राग आनी लज्जेची भावना; तळमळे; पुराय निर्शेणी; पुरो जावप.

chain (n) सरपळी; साखळ; □ रस्त; पंगत; □ (दुकानांची) हाळ; □ एका व्यापाऱ्याचीं ठायठाय आशिल्लीं विक्री-केंद्रां; • (v) सरपळेन बांदप; सांखळ घालप.

chair (n) आसन; बसका; कदेल; एक मनीस बससारकी फाटींची बसका; □ अध्यक्षपद; □ विद्यापिठांत खाशेल्या विशयाचो विभाग; अध्यासन; • **chairman** (n) अध्यक्ष (संस्थेचो, बसकेचो बी).

chaise (n) बग्गी; दोन चक्काची घोड्यान वा बैलान ओडिल्ली गाडी; सारवट.

chalk (n) खडू; शेड; • **chalk out** (v) आंखप.

challenge (n) आव्हान; कठीण काम; • (v) आव्हान दिवप; • **challenge a decision** (v) निर्णयाक आव्हान दिवप.

chamber (n) मानादीक व्यक्तींची बसपाची खाशेली कूड; कक्ष; लहानशें सभाघर; • **chamber of commerce** (n) व्यापार धंदो करतल्याची संघटणा; संस्था; व्यापार-मंडळ.

chameleon (n) तोपयो; शिल्लो; शेड्डो; □ चंचल सभावाचो मनीस.

champ (n) चॅक-चॅक आवाज कर्तात खावप; चरव खावप; □ कांचवेवन घांस मारप; • (n) चॅम्पियन उतराचो संक्षेप; वस्ताद.

champion (n) चॅम्पियन; (खेळांत) वस्ताद; स्पर्तेत पयलो; जैतवंत; □ दुबळांची कड घेवपी; बऱ्या वावरासत झुजपी.

chance (n) योगायोग; संद; अवसर; □ घटीत; नशीब; भाग्य.

chancellor (n) (धो) चान्सलर; □ विद्यापिठाचो कुलगुरू; □ कांय देसांनी सरकार-मुखेल.

chandelier (n) दिव्यांचो झुंबर.

chandler (n) मेणबाती करपी, विकपी; □ तारवाक गरजेच्या वस्तूंची पुरवण करपी.

change (n) बदल; फरक; परिवर्तन; वेगळेपण; □ हवाबदल; □ दुडवाचो खुर्दो; मोड; चिल्लर; • (v) बदलप; □ वाऱ्याक वचप.

channel (n) दोन समुद्रांक जोडपी जमनीमदल्यान वचपी उदकाचो पाट; खारीज; □ उदकाचो चर, पनेळ; □ आकाशवाणी वा दूरदर्शन चैनल; □ माध्यम; □ मार्ग, रस्तो.

chant (n) गीत; गायन; सुरार म्हणिल्लो जप; केल्लें नामस्मरण; म्हणिल्लें स्तोत्र; □ खेळगडे उमेदीन गायत वतात तसलें गायन; • (v) उजळणी करप; सुरार तेंच तेंच म्हणप.

chaos (n) बजबज; पुराय घुमपागोंदळ; बोंबाळ; च्यावच्याव; □ सांबाराउपरातची दशा.

chap (n) पोरगो; (किरकोळ व्यक्ती ह्या अर्थान) मनीस; □ कातीक पडटा तो कातरो; • (v) शियाक बी लागून कातीक कातरो पडप.

chapel (n) कपेल; लहान झार्ज; क्रिस्तांवाचो देवळी; • **chaplain** (n)

कपेलाचो पुरयत वा पाद्री; कपेलांव.

chaplet (n) फुलांचो झेलो; फांती; हळी; हार; माळ; कंठो; □ मणयांची माळ; जपाची माळ.

chapman (n) आदल्या काळचो भोंवतो व्यापारी; फेरीवालो; फेरयेकार.

chapter (n) अध्याय; पाठ; प्रकरण; आवेसोर; □ प्रसंग; प्रकरण (घडणूक); इतिहासीक घडणी; □ धर्मसंस्थेचो कायदो; □ पाद्रींची सभा; □ एकादेर संस्थेचो फांटो.

char (v) भाजप; लासप; करपावप; □ कोळसो करप; कोळसो जावप; • **charcoal (n)** कोळसो; • **holy charcoal (n)** आंगारो; • **burning charcoal (n)** इंगळो.

character (n) शीळ; वर्तन; चारित्र्य; चाल; सभावगूण; वागणूक; □ अब्रू; □ नाटकांतलें सवंग; पात्र; □ वर्ण; अक्षर; कुरू; □ खाशेलपण; खाशेलकाय; □ व्हड व्यक्ती; □ कोल्ली मनीस; रत्न (फकाण ह्या अर्थान); फकाण व्यक्ती; • **characterless (adj)** चरित्रहीन; शिद्दनिशिद्द नाशिल्लो; चलपांत, वागपांत विवेक बाळगिनाशिल्लो; • **characteristic (n)** खाशेलकाय; खेरीतपण; लक्षण; सभावगूण; विशेशताय.

charge (n) किचांट; आरोप; आळ; अपसरण; □ वर्जे; भार; वजन; □ दर; मोल; □ भाडें; □ खर्च; □ आंगार घाल्लो वावर; □ जतनाय; राखण; □ उडी; घुरी; □ आदेश; फर्मावणी; जबाबदारी; □ दारूगुळो; • (v) आरोप दवरप; □ किचांट घालप; □ दर लावप; मोल सांगप; घुरी घालप; • **charge-sheet (n)** आरोपपत्र.

charge d'affairs (n) उपराजदूत; भायल्या देसांत धाडिल्लो कार्यकारी राजदूत.

chariot (n) रथ; □ समारंभा वेळार वापरपाची चार चक्रांची घोड्यांगाडी; • **charioteer (n)** सारथी; रथ चलोवपी; • **huge chariot (n)** केर; तेर; व्हडलो रथ.

charisma (n) (घो) करिश्मा; मोहिनी; लोकाक आपलेथांय ओडपाचो फुडाऱ्याच्या आंगचो गूण.

charitable (adj) धर्मार्थ (ट्रस्ट); गरजेवंताक पावपी; परोपकारी; उदार मनाचो; सदळ हाताचो; दानशूर; • **charity (n)** दान; परोपकार; धर्मादाय.

charlatan (n) भोंदू; तड्डकी वैज; जो न्हय ताचो आव हाडपी मनीस; रुपडीं घेवन लोकाक नाडपी मनीस.

charlie (n) पिसांट; विचापात्र; फेंको.

charm (v) भुलोवप; मोहिनी घालप; पिशें लावप; • **(n)** भूल; जादू; मोहिनी; • **charmer (n)** मोहिनी घालपी; नाद लावपी; भूल घालपी; • **charming (adj)** भोवच सुंदर; ओडलायणो.

chart (n) प्रवासाचो नकसो; तकटो; • **charter (n)** अधिकारपत्र; घोशणापत्र; फर्मान; • **(v)** अधिकार दिवप; □ विमान, बोट बी भाड्यान घेवप.

charwoman (n) वावराडी; जाग्याची निवळसाण दवरूंक नेमिल्ली बायलमनीस.

chase (v) फाट धरप; फाटीक लागप; धांवडावप; • **(n)** छापखान्यांतलो टायप दवरपाचें चौकोनी तस्त.

chasm (n) घळ; चर; □ अंतर; मतभेद.

chassis (n) (मोटारीचो बी) पोंदचो गाडो.

chaste (adj) पवित्र; शुद्ध; सदाचारी; □ अनवाळो; • **chastity (n)** पवित्रताय; सदाचार; शुचिता; शील; □ अनवाळपण.

chat (n) गजाली; चकाटां; खबरी; • **(v)** गजाली करप; चकाटां मारप;

खबरी करप.

chateau (n) म्हाल; वाडो; किल्लो; कोट.

chattel (n) म्हालवज; आसपत.

chatter (n) बडबड; खळखळ; □ शेवण्यांचो चींचीं आवाज; • (v) बडबडप; खळखळप; किटकिटप; □ चींचीं आवाज करप; • **chatterbox** (n) बडबडो; वाचाविदळ.

chatwood (n) कांटयो; शिरपुटां.

chauffeur (n) (घो) शोफेर; मोटारीचो पगारी ड्रायवर; सारथी.

chauvinism (n) दुराग्रह; आपल्या देसाचो फाजील अभिमान; आपल्या देसाविशीं नसतो फुरफुरो; फाजील राष्ट्राभिमान.

cheap (adj) सवाय; मोलान उणो; मेळूंक सोपो; □ उणाक; • (adv) सवायभितर; • **damn cheap** (adj) फुकेसवाय.

cheat (n) नाड; ठक; फटकिरो; • (v) नाडप; दुसऱ्याचो आपल्या फायद्याखातीर घात करप.

check (n) तपासणी; नियंत्रण; बारीक नदर; • (v) तपासप; नियंत्रण दवरप; खरेपण काडप; तर्जप; • **checkmate** (v) बुद्धीबळांत मात करप; मुखार सरूंक आड्मेळें हाडप; पराजय करप; • **checkpoint, checkpost** (n) तपासणी नाको, मेट.

cheek (n) गाल; पोलो.

cheer (n) आनंद; आशा; उमेद; • (v) उमेद दिवप; उमेदी जावप; उमेदी करप; शाबासकी दिवप; • **cheers** (n) जयजयकार; जयघोश; • **cheerful** (adj) उमेदी; आनंदी; धादोशी; प्रसन्न; • **cheerless** (adj) खंती; उमेद नाशिल्लो; पडिल्ल्या मनाचो.

cheese (n) (घो) चीज; दुधाचो एक पदार्थ; पनीर.

chef (n) मोटें हॉटेल वा बोर्टीतल्यान रांदपाविभागाचो मुखेली; मुखेल आचारी; म्हाराज; पाकविशारद.

chemical (n) रसायण; • (adj) रसायण शास्त्रासंबंदीत; • **chemistry** (n) रसायणशास्त्र; • **chemist** (n) रसायणशास्त्री; □ वखदां विकपी; □ वखदांचें दुकान; • **chemical fertilizer** (n) रसायणी सारें.

cheque (n) (घो) चेक; धनादेश; हुंडी; • **blank cheque** (n) कोरो चेक.

chequered (adj) चित्रविचित्र; जिनसांवार, रंगीबेरंगी चौकटींचो; • **a chequered career** (n) जिवितांत सुखदुखाचे गिमाळे-पावसाळे पळयल्यात असो कार्यकाळ.

cherish (v) अपुर्बाय, कौतुक, मोग करप; जतनाय काडप; (उगडास) तकलेंत घोळोवप.

cherry (n) एक तांबडेंगुंज फळ; ह्या फळाचें झाड; □ तांबडोगुंज रंग.

cherub (n) गुटगुटीत, गोड, निश्पाप, निरागस भुरगें; □ देवदूत.

chess (n) बुद्धिबळाचो खेळ.

chest (n) छाती; हड्डें; □ पेट; खण.

chew (v) चोखप; तोंडांत घोळोवप; □ रवंथ करप; □ चिंतन करप.

chic (adj) झकपक; दोळ्यांत भरसारकें.

chicanery (n) तड्डक; फटवण.

chick (n) कुकडा-पील; • **chicken** (n) तांतयां वा मांसाखातीर पोशिल्लें कुकड; कोंबी; □ कोंबये मांस; □ (घो) चिकन; • **chicken-hearted** (adj) फुकफुको; भिजूड; • **chick-peas** (n) सोंडयाळे चणे; • **chicken-pox** (n) फुगांव.

chicory (n) करमेंत वा सालादांत

वापरपाची निळ्या फुलांची वनस्पत; काफये बदला हिच्या मुळांची बुकी वापरतात; □ (घो) चिकोरी.

chide (v) उजरावन काडप; शेडावप; तापोवप; रागान उलोवप.

chief (n) मुखेली; फुडारी; □ म्हत्वाचो; वयल्या पांवड्याचो; अग्रीम; • (adj) मुखेल; • **chief minister** (n) मुखेलमंत्री; • **chieftain** (n) पंगडाचो मुखेली.

chiffon (n) (घो) शिफॉन; एक पातळ लुगट.

chilblain (n) शिंयादिसांनी तळव्याक बी पडटा तो कातरो; □ करवण.

child (n) भुरगें; बाळक; • **childhood** (n) भुरगेपण, भुरगी पिराय; • **childish** (adj) (जाण्ट्यांक लेखून) पोरांटो कसो; भुरगे मतीचो; आचरट; • **childlike** (adj) भुरग्याभाशेन निश्पाप, निर्मळ, उजू (जाणटो); **children** (n) भुरगीं; भुरगींबाळां; □ काचींबुर्चीं; □ धुपूत.

chill (n) शेळाव; शीं; हिंव; आंग कातरपी थंडसाण; कुलकुलो; • (adj) आंग कातरपी (वारें); • (v) (पियेवपाचें) थंडगार करप; • **chilly** (adj) मातसो थंड; शेळाव बादता असो; □ इश्टागतीचो न्हय असो; कठोर.

chilli (n) मिरसांग; • **hot chilli** (n) तारवटी मिरसांग.

chime (n) घांटीचो टण टण गजर; घडयाळीचो गजर; झंकार; • **chime** (v) वाजप; पटप; समजिकाय जावप.

chimera (n) ग्रीक पुराणांतलो शिंवाची तकली, बोकडाचें धड आनी सोरपाची शेंपडी आशिल्लो राकेस • **chimerical** (adj) जें घडचेंना अशें; येवजणेपुरतें; सपनाळें.

chimney (n) (घो) चिमणी (दिवो); धुवराळें.

chin (n) खाडकी; ओणोली.

chinaware (n) चिनी मातयेचीं तरेकवार आयदनां वा वस्तू; पोर्सेलेनच्यो चिक्र-पिरयो बी. (चीन देशांत ह्यो वस्तू तयार जावंक सुरवात जाल्ली.)

chine (n) फाटीकणो; □ दोंगरमाथो; खोल अशीर घळ.

chink (n) खांच; चीर; चील; वेर; □ चिक्रांचो वा नाण्यांचो किणकीण.

chip (n) कातरून मोडून बी काडिल्लो कपचो; कापटी; कुडको; □ आडसराची तवली.

chips (n) मानां (बटाटाचीं, कणंगाचीं बी).

chirp (v) किडीचें रडप; चींऽऽ आवाज; □ चुरचुरीत उलोवप; • **chirpy** (adj) उमेदी; • **chirrup** (v) लागून आवाज काडप; चिंवचिंवाट; चिंवचिंव.

chisel (n) चिन्नें; विन्नें; शेणें.

chitchat (v) गजाली करप; झांकड्यो मारप; • (n) झांकड्यो; गजाली.

chivalrous (adj) दुबळ्यांक राखण दिवपी; पराक्रमी; काळजान उदार; • **chivalry** (n) दुबळ्यांचो चुरको; बायलांविशीं भोवमान; धाडस, साहस आदी गूण; शौर्य.

chloroform (n) (घो) क्लोरोफॉर्म; एक गुंगेचें वखद; हुंगरी.

chock (n) लाकडाचें खोड; होंडको (थांबिल्ले गाडयेचें चक्र थीर उरचें म्हण वापरपाचो).

chocolate (n) चॉकलेट.

choice (n) निवड; पसंती; रूच; वेंचणी; □ पर्याय; • (adj) वेंचीक; उंची; बेस बरें.

choir (n) इगर्जेतलो गावप्यांचो पंगड; गावप्यांचो पंगड.

choke (n) आडबांगें; आडावण; • (v) आडावण घालप; गुद्दो मारप; चोंदप; □ खिचप; तुंबप; घुसमटप; स्वास घेवंक आडखळ जावप.

cholera (n) (घो) कॉलरा; पटकी; हाग-ओंकीची पिडा.

choleric (adj) फट्ट करून उसळपी; तिट्ट जाता असलो; सभावान तापट.

choose (v) पसंत करप; वेंचून काडप; □ थारावप; • **choosy** (adj) चड बारिकसाणेचो; विचक्षण; जाचें सोपेपणी समाधान जायना असलो; • **chosen** (adj) वेंचून काडिल्लो; अपुर्वायेचो; आवडीचो.

chop (n) घाव; धक्को; □ (मटणाचो बी) कुडको; • (v) खांपावप; चाचावप; करवणा करप; बारीक कुडके करप; • **chopper** (n) सुरी; लहान कुराड.

chord (n) दोर; राजू; पास; □ वाद्याची तार; □ सूरमेळ.

chore (n) नित्याचो वावर; कटाळो हाडपी तोच तोच वावर.

choreography (n) नृत्यकला; नाचपी पंगडाच्या नाचाची मांडणी; नृत्यालेखन.

chorister (n) पगडातलो एक गावपी; (गाण्याचो) साथी.

chorus (n) गावपी पंगड; गायतल्या-नाचतल्याचो पंगड; मागातान केल्लें गायन; □ पालुपद; □ मुखेल कडव्याआदीत मगल्यानी एका सुरान गावन दिल्ली साथ.

christen (v) क्रिस्ताव धर्मात आमशावन घेतना नांव दिवपाचो संस्कार करप.

Christendom (n) संवसारांतलो क्रिस्तांव समाज; • **Christian** (n) क्रिस्तांव; • **Christmas** (n) (घो) क्रिसमस; नातलां परब; क्रिस्तजयंती.

chrome (n) धातूची घटसाण वाडची आनी तो कळमेवचो न्हय म्हणून काडपाचो एक लेप.

chronic (adj) (पिडा, रोग बी) जून; जडार पडिल्लो; परपरत उचकपी.

chronicle (n) घडिल्ल्या गजालींची जंत्री वा टांचण; बखर; • **chronology** (n) इतिहासाची सारकी तारखेवार नोंद; दिसपडटी नोंद; □ अशी नोंद करपाचें शास्त्र.

chubby (adj) (भुरगें) गुबगुबीत; गुलगुलीत.

chuck (n) कुकडाचो, बक्याचो कक् कक् आवाज; कुकडाक आपोवपाचो आवाज; □ मेस्ताची आंकडी; • (v) भायर मारप; सोडून मारप; साडप; त्यागप.

chuckle (n) दामून धरिल्लो हांसो; मुमुर्ख हांसें; □ कुकडाचो आवाज; • (v) आतलेभितर हासप; मुमुर्ख हासप; □ कुकडान कक् कक् करप; • **chuckle head** (adj) तकलेन गड्डो; बांडेर; उल्लू.

chum (n) जीवनकळेचो इश्ट; दाट इश्ट; • (v) दाट इश्ट जावप.

chump (n) वुद्दू नाशिल्लो; अन्नाडी; □ लाकडाचो मणकुटो; खोड.

chunk (n) (मांसाचो, उंड्याचो बी) दाट कुडको, वांटो.

church (n) इगर्ज; चर्च; क्रिस्तांवांचें देवूळ; देवस्थान; • **churchyard** (n) चर्चीभोंवतणची सुवात; प्राकार.

churl (n) चाडाळ; गांवढळ; असंस्कृत; उरफाट्या काळजाचो; चामटो; • **churlish** (adj) उणाक; असभ्य; उरफाट्या काळजाचो.

churn (n) ताक चाळपाचें आयदन; खवलो; रवी; • (v) ताक चाळप, घुसळप; लोणी काडप.

cicatrice (n) पेकिल्ल्या घायाची माव;

□ झाडाचे सालीचें खांप.

cigar (n) चिरूट; • **cigarette (n)** सिगरेट; सिगार.

cincture (n) कमरे-पटो; वाळो; काण; झालर.

cinder (n) अर्द्कुटो जळिल्लो कोळसो; • **cinders (n)** गोबर.

cinema (n) सिनेमा-घर; सिनेमा-थिएटर; □ (घो) सिनेमा; फिल्म; चलचित्र; □ कला वा उद्देग म्हणून सिनेमा निर्मिती; • **cinematograph (n)** सिनेमा दाखोवपाचें यंत्र; • **cinematography (n)** सिनेमा-शास्त्र; चलचित्रविद्या.

cinnabar (n) शेंदूर; पिंजर; कुकूम.

cinnamon (n) तिखी; तिखेसाल; दालचिनी.

cipher (n) गणितांत पुज्य; शून्य; ० कुरू; □ संकेत लिपी; गुपीत संदेश; □ काळ; यूग; □ मोल नाशिल्ली वस्त; कसपट मनीस; • **(v)** संकेत लिपयेंत बरोवप; गूढ उतरांनी बरोवप (जें जाणा ताकाच समजत अशें); □ गणिताचें उत्तर सोदून काडप.

circa (prep) लागींलागीं; • **circa 1700 AD** क्रिस्तवर्स 1700 चे लागींलागीं.

circle (n) वर्तूळ; वळें; वाटकूळ; चक्र; □ पंगड; □ कांय रस्ते मेळटात थंय जाता ती वाटकुळी सुवात; • **(v)** वाटकुळें भोंवप; घिट्ट्यो घालप; घुंवप; प्रदक्षिणा घालप; • **circlet (n)** कांकण; कडें; मुदी; वाळो; काण.

circuit (n) आवाठ; घेर; फेरो; भोंवारो; □ वर्तुळाभितल्ली सुवात; □ वाटकुळी भोंवडी; प्रदक्षिणा; □ विजेच्या झोताची वाट.

circular (adj) गोल; वाटकुळो; वर्तुळाचे आयटीचो; • **(n)** परिपत्रक; कळोवणी-पत्र; प्रसिद्धी-पत्रक; • **circulation (n)** (आंगांत रगताची) घोळटीक; घोळप; □ (खबरांपत्रांचो) खप, प्रसार, गिरायक-संख्या. **circumference (n)** वर्तूळ; घेर; परीघ; • **circumnavigate (v)** वाटकुळी भोंवडी काडप; बोटींतल्यान वा विमानांतल्यान पृथ्वीप्रदक्षिणा काडप; • **circumscribe (v)** घेरप; रेवाडो घालप; बंधन घालप; शीम घालप; • **circumspection (n)** चत्राय; चिंतन; शाणपण; हुशारी; शिटूकसाण; भोंवतणी पळोवप; सगलेवटेन विचार करप; • **circumstance (n)** खबर; प्रसंग; घडणूक; • **circumstances (n)** परिस्थिती; आवतिकाय; दशा; (व्यक्तीची) अर्थीक स्थिती; • **circumstantial (adj)** परिस्थितीक धरून आशिल्लो (पुरावो); काळ, वेळ आनी मुखार आयिल्ली (म्हायती); गवाय कसो मानिल्लो (पुरावो); • **circumvent (v)** फटोवप; घात करप; चक्रव्युहांत सांपडावप, सांपडप; □ कायद्याच्या बचक्यांतल्यान वांचप.

circus (n) (घो) सर्कस; □ भोंवतणी बसपाची पाज्ज आशिल्ली वाटकुळी माची; खेळां-मळ; □ जंय जायते रस्ते मेळटात ती सुवात.

cistern (n) उदकाची टांकी; कोळमी; कुंड.

citadel (n) शाराचे वा नगराचे राखणेपासत ऊंच दोंगरार बांदिल्लो किल्लो; गड.

citation (n) भोवमानाची उतरावळ; □ उल्लेख; बरपांतलें वाक्य वा वांटो; • **cite (v)** बरपाचो उल्लेख करप; लक्षांत हाडून दिवपाखातीर सांगप; केल्ल्या व्हड वावराखातीर नांव घेवप; □ समन्स धाडून न्यायालयांत आपोवप.

citizen (n) देशाचो नागरीक; □ नगरवासी; शारांत रावपी; • **citizenship (n)** नागरिकत्व; नागरीकपणाचे हक;

• **city (n)** शार; नगर.

citron (n) मावळींग.

citronella (n) गंजनाचे जातीचें एक तण; ह्या तणापासून काडिल्लें तेल.

civic (adj) शाराचो वा शारासंबंदीत; नागरिकाचो वा नागरिकासंबंदीत; • **civics (n)** नागरिकशास्त्र; • **civic rights (n)** नागरिकाचे अधिकार; • **civic sense (n)** नागरीक जाण.

civil (adj) दिवाणी; नागरी; मुलकी; • **civil appeal (n)** दिवाणी अपील; • **civil defense (n)** नागरी संरक्षण; • **civil disobedience (n)** सविनय कायदेभग; • **civil law (n)** दिवाणी कायदो; • **civil marriage (n)** सरकारांत नोंद करून जाल्लें लग्न; • **civil service (n)** प्रशासकीय सेवा; • **civil war (n)** यादवी; नागरिकांत आपसांत झूज; • **civilian (n)** सामान्य नागरीक (जो पोलीस वा फौजेंत ना अशो).

civilization (n) सुसंस्कृताय; सभ्यताय; सुधारणा; • **civilize (v)** सुधारप; सुसंस्कृत करप; □ चौगांत हाडप; मनशाळो करप.

clad (adj) नेशिल्लो; आंग कपड्यांनी धांपलां असो.

claim (n) दावो; हक; • **(v)** दावो लावप; हक सांगप; (लक्ष) ओडप वा दिवंक मागप; • **claimant (n)** दावेदार; वादी; हक सांगपी.

clamber (v) हातापांयांचो उपेग करून (माडयेर, माडार वी) चडप.

clamour (n) मागपाखातीर बोबाळ; कलकलाट; • **(v)** बोबाळ करप; कलकलाट करप; करंदाय करप; कंकासप.

clamp (n) गचकी; चिमटो; सापटी; • **(v)** (कर्फ्यू वी) लागू करप; घालप; लादप.

clan (n) कूळ; गोत्र; घराणें; वंश; वर्ग; पंगड; • **clansman (n)** जमातीचो वांगडी.

clandestine (adj) लिपचोरयां केल्लें; कोणाक कळनासतना केल्लें.

clang (n) टणटण् आवाज; खणखणीत नाद (घांटीचो वी); • **(v)** खणखणीत आवाज काडप.

clank (n) झणझण्, खणखण् आवाज (तरसादीचो वी); • **(v)** झणझण् आवाज काडप.

clap (n) हातांची ताळी; • **(v)** ताळयो पेटप; (फाटीर हात मारून) शाबासकी दिवप.

clarification (n) फोडणिशी; समजाविशी; स्पश्टीकरण; उलगडो.

clarionet (n) शेनाय; • **clarion (n)** शींग; तुतारी.

clarity (n) उजवाड; स्पश्टपण; निवळ्साण.

clash (n) संघर्श; विरोध; □ व्हड आवाज; • **(v)** आपटप; व्हड आवाज जावप.

clasp (n) कोयणी; वेंग; घट धरपाचें बकल; • **(v)** वेंग मारप; हातांत हात दिवप; दोनूय हातांचीं बोटां एकामेकांत घुसपावप.

class (n) वर्ग; जात; पत; तरा; □ (विद्यालयांतलो) वर्ग; • **(adj)** उत्कृश्ट; बेस बरो; नुमी; • **classroom (n)** (घो) क्लासरूम; विद्यालयांनी वर्ग घेतात ती कूड; • **classification (n)** वर्गवारी; पंगडांत वांटणी; • **classify (v)** वर्गवारी करप; पतीप्रमाण वांटप; विशयाप्रमाण वेगळावप; • **classmate (n)** वर्गसांगाती; वर्गांत वांगडा शिकपी.

classic (n) उच्च कोटीचो ग्रंथ; उच्च कोटीचो लेखक वा कलाकार; • **(adj)**

अभिजात; साहित्य आनी कलेंत सगल्यांत वयल्या पांवड्याचो; आदर्श म्हणून मुखार दवरपाचो; • **classics (n)** ग्रीक आनी रोमन भाशांतले पुर्विल्ले ग्रंथ; • **classical music (n)** शास्त्रीय संगीत.

clatter (n) खळखळ; खणखण; जड वस्तू आपटल्ल्याचो वा पडिल्ल्याचो आवाज; • **(v)** बोवाळ करप; कलकलाट करप.

clause (n) नेम; (कायद्याचें, कबलातीचें बी) कलम; □ वाक्याचो वांटो; उपवाक्य.

claw (n) दावकूल; बोचकूल; दांगो; चिमटो; □ बुरसो हात; □ फाफसप; बुड्डप; भुरको काडप (दावकुलान बी).

clay (n) माती; विटो बी करपाची माती; कुमारमाती; चिकणमाती; शेड.

clean (adj) निवळ; निर्मळ; म्हेळो न्हय असो; □ दाग नाशिल्लो; □ सवळो; अनवाळो; निश्कलंक; • **(v)** धुवप; निवळ करप; निगूत करप; • **cleaner (n)** (घो) क्लीनर; धुवपी; निवळ करपी; • **cleanliness (n)** निवळसाण; नितळाय; स्वच्छता; • **clean sweep (n)** पुराय जैत; जैताची उडी; • **cleanse (v)** धुवप; निवळ करप; □ (नुसतें बी) उजरावप.

clear (adj) निवळ; स्पश्ट; दोश नाशिल्लो; समजता असो; • **(v)** निवळ करप; स्पश्ट करप; • आडखळीपासून मेकळो करप; • **clearance (n)** (आडायल्ल्या म्हालाची) सोडणूक; (तपासणेअंती) म्हाल व्हरूंक मान्यताय; • **clearance sale (n)** म्हालाची सवाय देरेन विक्री; • **clearly (adv)** दुबावाविरयत; खरेपणीं; खात्रीन; स्पश्टपणान; • **clear-sighted (adj)** स्पश्ट नदरेचो; सारकें येवजुपी.

cleavage (n) फूट; मदली खांच; पोकळसाण; अंतर; □ मतभेद; वेगळेचार.

cleave (v) चिरप; पिंजप; वेगळो करप; कुडके करप; • **cleaver (n)** खाटकाची सुरी.

clemency (n) काकूट; क्षमा; चुरको; दया; मोवाळपण; • **clement (adj)** दयाळ; मोगाळ; कृपावंत.

clergy (n) (क्रिस्तांवांत) पुरयत वर्ग; • **clergyman (n)** पाद्री; पुरयत.

clerical (adj) कचेरेंतल्या बरपासंबंदीत; कारकुनकेसंबंदीत; • **clerk (n)** (घो) क्लार्क; कारकून; कचेरेंतलो बरपी.

clever (adj) बुदवंत; शिटूक; हुशार.

cliche (n) चोंथो; □ जांतली नविदाद सोंपल्या अशो खबरी, येवजण्यो बी.

click (n) कसलेय वस्तूची कळ दामिल्ल्याचो आवाज; कॅमेऱ्याचो बी क्लिक् आवाज; खट् जाल्ल्याचो आवाज; • **(v)** (वावर, येवजण बी) जैतवंत जावप; □ कडक् असो आवाज जावप.

client (n) गिरायक; अशील; डॉक्टरांचो पेशंट; • **clientele (n)** गिरायक वर्ग.

cliff (n) सुळको; ऊंच उबें तळप.

climate (n) देशप्रकृती; प्रदेशाचें त्यात्या वेळावयलें हवामान; □ मतांचें वा विचारांचें वारें.

climax (n) (कसलेय गजालीचें) तेमूक; तेंगशी; चडटे कळेचो निमाणो अविश्कार; □ कळस; □ परमोच्च बिंदू.

climb (v) चडप; वयर वचप; उदरगत सादप; • **climber (n)** वयर चडपी; □ वाल.

clinch (v) आवळप; अंदप; □ खिळो मारले उपरांत ताचें तोंक बागोवप; □ (वेव्हार) तडीक पावोवप; किजिलां, प्रस्न बी मेकळे करप.

cling (v) वेंगावप; वेंग मारून रावप; दसून रावप; बांदून रावप.

clinic (n) पिडेस्तांक तपासपाची सुवात; खासगत हॉस्पिटल.

clink (n) किणकिण (आवाज); • (v) किणकिण आवाज जावप; • **in clink** बंदखणींत.

clip (n) (घो) क्लीप; लहान चिमटो; चाप; • (v) कापप; (केंस) कातरप; उतरांतलें अक्षर गाळप; तिकेटीचेर तपासणे-अंतीं बुराक मारप; □ पेपराचें कातरण काडप; • **clippers** (n) कातर; नाखी (नाखटां कापचेली); • **clipping** (n) कापणी; □ वर्तमानपत्राचें कातरण.

clique (n) तिगां-चौगांचो पगड; त्रिकूट; चौकडी; कंपू.

cloak (n) हातकापी कावाय; मदळ आंगावेलें; □ चादर; पांगरूण; □ नीब; निमित्त; आव; सवंग; • **cloak room** (n) रेल्वे स्टेशनाचयली थोडो काळ सामान दवरपाची कूड; □ सामान-घर.

clock (n) घड्याळ; • **clockwise direction** (n) घड्याळाचे कांटे धुवतात ती दिशा.

clod (n) मातयेचो दिफळो; दिफळ

clog (n) एके तोंगी खडाव; पादुका; □ बैलाक बादतात तो खोंडो; आडबारें; □ बादा; विघ्न; • (v) खोडो घालप; भार जावप.

cloggy (adj) चिकचिकीत; चिकट; पांकट.

cloister (n) एकातवासांत राखपाचो खाशलो मठ, • (v) एकातवासांत राखप (खाशेल्या मठांत); संवसारीक जंवजाळांपासून पयस रावप.

close (adj) लागीचो; धांपिल्लो; • (n) समाप्ती; शेवट, • (n) धांपिल्ली सुवात; • (v) सोंपोवप; बंद करप; धांपप; • **closely** (adv) गच्च; वणखून; तेंकून; लक्ष दिवन; चित्त लावन; बारिकसाणेन; लागींच्यान; • **closet** (n) कत्रेल; साप लहान कूड; • **close-up** (n) लागींच्यान काडिल्लो फोटो वा चित्र; • **closure** (n) अखेर; अंत; शेवट.

clot (n) गताचो गोठेल्लो गुळो; गोठेल्लो गुळो; □ मूर्ख मनीस.

cloth (n) वस्त्र; सणंग; लुगट; • **piece of cloth** (n) आंगसो; • **clothe** (v) नेसप; नेसोवप; मुस्तायकी घालप; • **clothes** (n) तयार कपडे; आंगाचीं; आंगावेलीं; • **clothier** (n) कपडे तयार करपी आनी विकपी; • **clothing** (n) नेसपाचीं वस्त्रां; मुस्तायकी.

cloud (n) कूप; ढग; □ सावट; काळखाचो पड्डो; □ उडपी भिरें; • (v) मळब कुशीनी भरप; काळोख दाटप; आंदरप; दमळ जावप; • **cloudless** (adj) कुशा नाशिल्लें, नितळ, उकतें (मळब); • **cloudy** (adj) कुशांनी भरिल्लें (मळब).

clout (n) हातान वा वस्तून मारिल्लो जबरदस्त धपको; बखादी; □ गजकी प्रभाव; वजन; □ फाळो; तिस्ती; • (v) नेटान धपको मारप.

clove (n) लवंगाचें झाड; लवंग.

clown (n) (घो) जोकर; सर्कशींतलो विदुशक; □ तणाचें बावलें.

cloy (v) हिसपाभायर मेळिल्ल्यान उबगण येवप; जेवण-खाण नाका जावप; वीट येवप; माट बसप.

club (n) (घो) क्लब; संघ; संस्था; संस्थेचीं सुवात; □ तोणको; दांडूल; गदा; • (v) तोणक्यान मारप.

clue (n) माग; सुलूस; संकेत; सुत्र; कुवाडें सोडोवपाची गोम.

clumsy (adj) धोंगटो-पोंगटो;

अबडदबड; □ वापरूंक किचकनडीचो.

cluster (n) घोंस; तुरो; चोंबो.

clutch (n) (घो) गाडयेचो क्लच; □ बचको; चपको; • **(v)** चपक्यांत धरप; उमळशिकेन ताब्यांत घेवप; • **(n)** कुकडांची पिलावळ; तांतयांची रास.

clutter (n) गोंदळ; बोवाळ; अस्ताव्यस्त अवस्था.

coach (n) (घो) कोच; रेल्वेचो डबो; बस; □ खेळगड्यांक शिकोवपी मेस्त्री; • **(v)** शिकोवन तयार करप (खेळूंक).

coadjutor (n) पालवी बिशप.

coagulate (v) गोठेवप; शेकेवप; किणेवप.

coal (n) खणींतलो कोळसो; • **coalmine (n)** कोळशा-खण

coalesce (v) चड जाणांनी एकवट करप; मेळ घडप; आघाडी करप; एक जावप; एकवटप; • **coalition (n)** एकवट; एकठांय रावपाची तजवीज; आघाडी; • **coalition government (n)** संमिश्र सरकार.

coarse (adj) साकाटो कसो; (कपडो) जोगडो; दाट; नाजूकसाण नाशिल्लो; □ रानवट; बर्बट; □ कड्डो.

coast (n) दर्या देग; दर्या वेळ.

coat (n) (पो) कोट; ज्युदी; □ खतो; थर; लेप; □ आंग धांपपी ल्हंव; • **coating (n)** थर; लेप; □ दाट लुगट.

coax (v) पारासप; मन फिरावप; □ फुलां माळून काम करून घेवप.

cob (n) तट्टू; घोड्लक; □ वाटकुळो गुळो.

cobalt (n) (घो) कोबाल्ट; एक धातू.

cobble (n) रस्त्याखातीर वापरपाचो शेंकरो; गुळगुळीत फातर; • **(v)** कपी मारप; चामडें बी शिंवप.

cobra (n) सोरोप; नाग.

cobweb (n) कापडयाचें जाळें; कोळिश्टक; घयरांव.

cock (n) कोंबो; • **cock-fight (n)** कोंब्यां-झूज (लोकापासत एक मौजेचो खेळ); • **cockpit (n)** विमानांत पायलट बसता ती सुवात; □ कोंब्या-झुजाचें खळें; • **cockscomb (n)** कोंब्याचें शेंकरें; • **(n)** एके तरेचें फूल.

cockroach (n) जल्लो.

cocksure (adj) खात्रीचो; सामकें खरेपण जालां असो; □ गर्विश्ट; उर्मट; मातगो.

cocoa (n) कोकोचो पिठो; कोको (पियेवचेलो).

coconut, cocoanut (n) नाल्ल; • **tender coconut (n)** आडसर; • **wet copra (n)** कातली; • **dry copra (n)** खोबरें; • **copra oil (n)** खोबरेल; नाल्लेल; • **scrapping of coconut (n)** सोय; • **extract of coconut (n)** आपरोस; • **coconut sapling (n)** कवाथो; • **coconut palm (n)** माड; • **tender leaf (n)** शिवडी; • **piece of coconut palm trunk (n)** करवो; • **coconut plucking or harvest (n)** पाडो; • **coconut plucker (n)** पाडेली.

cocoon (n) रसमाच्या किड्यांचो घोंटो (कोश).

cod (n) एक व्हड नुसतें (हाच्या फिग्दापासून कॉडलीवर ऑयल करतात).

coddle (v) चड लाड करप; चड जतनाय घेवप; अपंगूळ कसो वागोवप; □ तांतीं हरवंसार उकडप.

code (n) कायद्याचो कोश; संकेतीक शब्दकोश; नेमावळ; संहिता; • **codify (v)** कायदे आनी नेमांची वळेरी करप; • **coded (adj)** संकेतीक.

codex (n) नेमांचें पुर्विल्लें हातबरप; वखदांची जंत्री.

co-education (n) चल्या-चलयांक एकठांय शिक्षण; सहशिक्षण.

coerce (v) दादागिरी करप; जबरीन काम करून घेवप; जबरदस्ती करप.

coeval (adj) एकेंच पिरायेचे; एकाच काळांतले; समकालीन.

coexist (v) सांगातान जियेवप; वांगडा रावप.

coffee (n) कॉफी.

coffer (n) तिजोरी; मोलादीक वस्तू दवरपाची पेट.

coffin (n) कायशांव; प्रेताची कास.

cog (n) यंत्राच्या चक्राचो दातगे; दांतऱ्यांचें चक्र.

cogent (adj) पुरय पटपासारकें; भरवंशाचें; खात्रीचें.

cogitate (v) कसल्याय प्रस्नामंबदान खोल चिंतप; येवजप.

cognate (adj) सबदीत; गोत्री; □ मूळ भास एक अशें (उतर), • **cognation** (n) नातें; सबद; • **cognate word** (n) जाचो अर्थ एकूच आसता अशें दोन भासांतलें उतर.

cognition (n) नोंद; दखल; जाणविकाय; समज; गिन्यान; • **cognizable** (adj) चवकशी करपासारको; दखलपात्र (गुन्हाव); नोंद करपासारको; • **cognizance** (n) नोंद; लक्षांत घेवप.

cohabit (v) वांगडा, सांगातान रावप; घोव-बायल कशीं रावप.

coheir (n) यरदेगीतलो एकलो; हेरांवांगडा येणावळीचो हकदार.

coherent (adj) समजुपासारको; मेळ आशिल्लो; सुतार आशिल्लो; सायसंगीत; • **cohesion** (n) सुमेळ; समजिकाय; • **cohesive** (adj) मेळ सादला असो.

coil (n) राजू, सरी वी हांचें वेटाळें; • (v) गुठलावप; रेवडावप; वेटाळें करप.

coin (n) नाणें; (v) तयार करप; घडोवप.

coincide (v) जिस्त जुळून येवप; वांगडाच घडप; • **coincidence** (n) योगायोग; वांगडाच घडिल्ली गजाल.

coir (n) (नाल्लाचो वी) काथो.

cold (n) थंडी; गेळाव; शीं; □ भारकूण; थंडी; • (adj) थंड; □ इत्सा नाशिल्लो; उदासीन; मख्ख; • **coldness** (n) थंडाय; बेपर्वा; • **cold-blooded** (adj) निश्ठुरतायेचो; दया-माया धरिनासतना केल्लो; • **cold war** (n) (फार-पेट सुरू जावचेपयलीची) झुजाची परिस्थिती; • **cold wave** (n) शियाचें लहार; हींवल्हार.

colic (n) पोटखाणें; पोटांत जावपाची पिडा; वळाठो; वेठो.

collaborate (v) हातांत घेतिल्ल्या वावरांत सांगात दिवप; एकादरो प्रकल्प सांगातान करप; काम वांटून वावरप; □ दुस्मानाकडेन संगनमत, फितुरी करप.

collapse (v) कोसळप; हुमटून पडप; □ अकस्मात बरो ना जावप; □ सोंपप; बंद पडप; • (n) हार; धूळदशा; नाश; विध्वंस; सकयल पडप.

collar (n) (घो) (कोटाची वी) कॉलर; गळ्याची पट्टी.

collateral (n) सगोत्र; पालवी; (adj) वांगडचो; बराबरचो; □ **collateral security** (n) अदिकतराचें तारण (व्यक्ती सोडून).

colleague (n) धंदो-वेवसायांतलो वांगडी; नोकरी करता धंयचो सांगाती; विद्यालयांतलो वर्गभाव.

collect (v) जमोवप; एकठांय करप;

पुंजावप; वसूल करप; वेंचप; एकठांय जावप; • **collected (adj)** जमयल्लो; पुंजायल्लो; संग्रह केल्ले (लेख); □ थीरचित्त; • **collection (n)** जमो; पुंजो; रास; संग्रह; सांठो; संकलन; □ वसुली; • **collective (adj)** एकवटीत; सामुदायिक; • **collector (n)** (घो) कलेक्टर; जिल्ह्याचो प्रशासक; □ पुंजावपी; वसुली करपी; □ संग्राहक.

college (n) (घो) कॉलेज; महाविद्यालय; • **collegian (n)** कॉलेज विद्यार्थी वा पदवीधर.

collide (v) आपटप; धपटप; लकप; • **collision (n)** धांवत्या वाहनाचें आपटप; टक्कर; □ हितसंघर्श.

collier (n) कोळशाचे खणीचो धनी; □ खणीचो कामदार; □ कोळसो हाड-व्हर करपी तारूं; • **colliery (n)** कोळशाची खण.

collocate (v) उतरां फावो ते सुवातेर घालप; मेळ जुळोवप.

colloquial (adj) चालंत, तोंडानी घोळपी, साहित्यीक वा शब्दार्थान घेवपाची न्हय अशी भास; • **colloquy (n)** भासाभास; चर्चा.

collude (v) (दुसऱ्याक नाडपाचें) सांगातान कारस्थान रचप; संगनमत करप; • **collusion (n)** कारस्थान; संगनमत; षड्यंत्र; संदान.

cologne (n) एक परमळीत सुगंध.

colon (n) बरपांतली (:) अशी कुरू; □ व्हडली आंतकडी; नळ.

colonel (n) (घो) कर्नल; सेनेचो एक अधिकारी.

colonial (adj) वसणुकेसंबंदीत; • **colonialism (n)** वसणूकवाद; एका प्रदेशान दुसऱ्या प्रदेशाचेर चलयल्लो शेक; • **colonist (n)** वसणुकेंत रावपी; वसणुकेचो रयवाशी; • **colony (n)** वसणूक; वसती; □ शारांत एकाच वेवसायांतल्या वा वर्णांतल्या लोकांची वसती.

colophon (n) पुस्तकाचे सुर्वेक वा शेवटाक दिवपाची उजवाडावपी, बरोवपी, वर्स आदीसंबंदी टीप.

colossal (adj) आकांताळो; विराट; दिग्ग; • **colossus (n)** म्हान व्यक्ती; खूब मोटो मनीस.

colour (n) रंग; वर्ण; • **(v)** रंग लावप; रंगोवप; • **colour bar (n)** रंगभेद; कातीच्या रंगावयल्यान मनशांमनशांमजगतीं वेगळेचार; • **colourful (adj)** रंगीत; रंगीबेरंगी; चित्रविचित्र; विविधरंगी; झगझगीत; • **colour scheme (n)** रंगाची मांडणी; रंगसंगत.

column (n) खांबो; स्तंभ; □ सैन्याचो पंगड; □ खबरांपत्रांतल्या मजकुराचो उबो खण; उबो खण.

coma (n) सुद्द वगडायल्ली अवस्था; चिनारी; बेशुद्धी.

comb (n) दांतोणी; फणी; □ कोंब्याचें शेंकरें; □ (मुसांचें) मालें; पोळें; • **(v)** केंस वळोवप; केंस उगोवप; मागो काडप; □ पोलिसांनी बी वाटार पुरायेन सोदप.

combat (n) लडाय; झूज; □ लटाफट; • **(v)** झुजप; लडाय करप; □ विरोध करप; आड वावरप; • **combatant (n)** झुजपी; लडाय करपी.

combination (n) जुळवण; भरस; मेळ; संगती; संयोग; एकवट; • **combine (v)** जुळोवप; भरसप; मेळ घालप; एकवट करप.

combustible (adj) उजो लागता तसलो; पेट घेवपी; • **combustion (n)**

जळप; पेट; लासपाची क्रिया.

come (v) येवप; पावप; जावप; घडप.

comedian (n) विनोदी, हांसोवपी कलाकार; • **comedy** (n) हांसयणी घडणी; हांसयणो खेळ वा नाटक; जाचो शेवट गोड जाता अशें नाटक.

comely (adj) गोमटो; देखणो; रुपेस्त.

comet (n) धूमकेतू; शेंड्यानखेत्र; धुंवरें नखेत्र.

comfit (n) खाज घालून केल्लो फळार; मिठाई; पक्वान्न.

comfort (n) सुसेग; मस्तताय; सूख; □ बुजवण; दुखखापासून सुटका; • (v) बुजवण दिवप; • **comforts** (n) संवसारीक सूख दिवपी तरेकवार वस्तू; • • **comfortable** (adj) खुशाल; सुसेगाद; सस्त; त्रासापासून मेकळो; पावसारकी (जोड); • **comforter** (n) बुजवण दिवपी.

comic (adj) हांसयणो; फकाणेर; विनोदी; • **comics** (n) हांसयण्या चित्रांचीं पुस्तकां.

comity (n) मानसन्मान; बरेपण; इश्टागत; □ शिश्टाचार; • **comity of nations** (n) राष्ट्रांचो संघ.

comma (n) अल्पविराम; बरपांतली (,)अशी कुरू.

command (v) फर्मावप; आज्ञा करप; शेक चलोवप; • (n) फर्मावणी; वर्चस्व; वरतेपण; शेक; तावदारकी; □ फौजेतलो पगड; • **commandant** (n) सेनापती; • **commander-in-chief** (n) सरसेनापती; • **commanding** (adj) शेक चलोवपी; सत्ता गाजोवपी; सभावान कडक; • **commandment** (n) दैवी आज्ञा.

commando (n) (घो) कमांडो; घुरी घालूंक खास शिक्षण दिवन तयार केल्लो सैनीक.

commemorate (v) उगडास मनोवप; उगडासाची कार्यावळ दवरप.

commence (v) आरंभ करप; सुरवात करप; • **commencement** (n) आरंभ; सुरवात.

commend (v) कौतुक करप; तुस्त करप; तोखेवप; □ शिफारस करप; • **commendable** (adj) तोखणाय करीसारको; कौतुकाचो.

commensurate (adj) अनुरूप; जुळसारको; समव्यापी.

comment (v) प्रतिक्रिया व्यक्त करप; भाश्य करप; शेरो मारप; • (n) प्रतिक्रिया; भाश्य; शेरो; • **commentary** (n) वर्णन; विवरण; टिका; • **commentator** (n) वर्णन करपी; विवरण करपी; टीवी वा रेडियोवयल्यान वर्णन करपी; भाश्य करपी.

commerce (n) व्यापार; उद्देग; धंदो; • **commercial** (adj) व्यापाराविशीं; □ व्यापारी (घर, मार्ग बी).

commission (n) (घो) कमिशन; दलाली; □ अधिकार; □ आयोग; समिती; • (v) अधिकार दिवप; सुरू करप; □ फर्मावप.

commit (v) (चूक, गुन्याव) करप; उतरान बांदून घेवप; रावप; सुपुर्द करप; सुवादीन करप; उतर दिवप; • **commitment** (n) उतर; वायदो; □ बांदिलकी; निश्ठा; जापसालदारकी; कबलात.

committee (n) (घो) कमिटी; समिती; मंडळ.

commix (v) चारचौगांत वावरप; भरसप.

commode (n) (घो) कोमोड; धांकण्याचो संडास; शौचपात्र; □ खणांची नक्षीची आरमार.

commodious (adj) आयसपयस;

विसकळ.

commodity (n) विकऱ्याची वस्त; कारखान्यांतलो म्हाल; गरजेचो जिनस.

commodore (n) नाविक दलाचो एक वरिश्ट अधिकारी.

common (adj) चौगांचें; धा जाणांचें; भौशीक; समेस्तांचें; □ सदचें; सादें; सामान्य; □ किरकोळ; • **commoner (n)** सामान्य मनीस; • **common sense (n)** वेव्हारीक शाणपण; अक्कल; बुदवंतकाय.

Commonwealth (n) राष्ट्रकुल; इंग्लंडांतल्या आदल्या वसणुकांचो संघ.

commotion (n) आकांत; उचांबळाय; घुसपागोंदळ; कुलकुलाट.

communal (adj) जमातीचो; जातीचो; पंगडाचो; • **communalism (n)** धर्मवाद; संप्रदायवाद; जातीयतावाद.

commune (n) आश्रम; खाशेल्या वावरापासत कांय लोकांनी केल्ली वसणूक; साम्यवादी समाजजीवन.

communicate (v) कळीत करप; तोंडान सांगून वा चीट बरोवन कळोवप; □ संबंद दवरप; □ वसो लावप; • **communication (n)** कळोवणी; निरोप; रकाद; □ येरादारी; □ संपर्क; • **communique (n)** अधिकृत कळोवणी; म्हायती-पत्रक.

communion (n) दाटी; सांगात; □ क्रिस्ताच्या नांवान घाल्ल्या देवकाऱ्यांत वांटो घेवप.

communism (n) (घो) कम्युनिझम; साम्यवाद; • **communist (n)** (घो) कम्युनिस्ट; साम्यवादी व्यक्ती.

community (n) समाज; जमात; जात; वर्ग.

commute (v) दिसपट्टी गाडयेन, बसीन वी येरादारी करप; □ अदलाबदल करप; □ फर्मायल्ली ख्यास्त उणी करप.

compact (adj) एकजीव; अखंड; घट; जिस्ताजिस्त; • **(n)** बायलांचे पर्सींतली प्रसाधनाची डबी.

companion (n) सांगाती; वांगडी; □ जोडयेंतलो एकलो; □ बोटीवयलो दिवो.

company (n) सांगात; वांगड; □ मंडळी; □ व्यापार-धंद्याची कंपनी; नाटक-मंडळी; □ सैन्यांतलो पंगड.

compare (v) तुळा करप; सर करप; • **comparison (n)** तुळा; सर; बराबरी.

compartment (n) कूड; कोठी; खण; □ गाडयेचो डबो.

compass (n) (घो) कंपास; होकायंत्र; दिशा दाखोवपी यंत्र; □ विद्यार्थ्यांची कंपास-पेट; □ घेर; फेरो; • **(v)** प्रदक्षिणा घालप; फेरो घालप.

compassion (n) कळवळो; चुरको; काकूट; दया; • **compassionate (adj)** दुसऱ्याच्या दुख्खान कळवळपी; जाका चुरको दिसता असो.

compatible (adj) जुळटा असो; योग्यतायेचो; फावोसो; सोबसारको.

compatriot (n) देसभाव.

compel (v) जबरदस्ती करप; एकादें काम करूंक जबरी करप; लाचार करप; बळान करून घेवप; करचेंच पडप.

compendium (n) गरजेचे म्हायतीची पुस्तिका; नेमावळ; आटाप; सार.

compensate (v) लुसकान-भरपाय दिवप; लुसकान केल्ल्यान आदाव करून दिवप; □ दोश लिपोवन गूण वाडोवन दाखोवप; □ उणाव भरून काडप; □ दंड भरप; • **compensation (n)** लुसकान-भरपाय; पयशांनी फारीक केल्लें लुसकान.

compere (n) कार्यावळीचें सुत्रसंचालन

करपी व्यक्ती; • (v) सुत्रसंचालन करप.

compete (v) स्पर्धा करप; सर्तीत वांटो घेवप; पोवठी धरप; • **competition** (n) स्पर्धा; सर्त; होड; • **competitive** (adj) योग्य; चड म्हारग न्हय, चड सवाय न्हय असो; □ स्पर्धात्मक (परिक्षा); सर्तीत तगपी (दर); • **competitor** (n) स्पर्धेत वांटो घेवपी.

competent (adj) लायक; पात्र; योग्यतायेचो; समर्थ.

compilation (n) संकलन; मांडणेन केल्ली एकवठावणी; • **compile** (v) मांडणेन एकेकठेन करप; दाळप; संकलन करप; वळेरी करप; संग्रह करून पुस्तक तयार करप.

complacency (n) आत्मसंतुश्टताय; आपल्याच गगनात रावपाची वृत्ती.

complain (v) तक्रार करप; फिर्याद करप; □ (पिडेक लागून) पिरंगप; शिणप; • **complainant** (n) तक्रार करपी; फिर्यादी; □ पिरंगुपी; • **complaint** (n) तक्रार; फिर्याद; □ पिरंगण.

complaisant (adj) सभ्य; शिश्ट; प्रसंगार पावपी.

complement (n) भर; भराताड; पुरवण; • (v) भराताड करप; पुरवण करप; • **complementary** (adj) भराताडेक गरजेचो; पुराय करंक उपेगाचो; पूरक.

complete (adj) आख्खो; पूर्ण; पुरतो; सगल्यासगलो; अखणो; □ सोंपिल्लो; • (v) पूर्ण करप; पुराय करप; सोंपोवप; सरतेक पावोवप; • **completion** (n) पुर्ती; समाप्ती; अंत; शेवट; अखेर.

complex (adj) किचकनडीचो; घुसपागोंदळाचो; समजूंक कठीण; • (n) एकठांय आशिल्ल्या इमारतींचो पुंजो; □ गंड; हांवपण; • **complexity** (n) किचकनड; किचकट; घुसपागोंदळ.

complexion (n) रंग; रूप; रुपकार.

compliance (n) मान्यताय; हयकार; पाळो.

complicate (adj) किचकनडीचो; घुसपणेचो; गटखळ; • (v) गटखळ करप; किचकनडीचो करप; कठीण करप; • **complication** (n) नड; गोंदळ; घुसपण; प्रस्न; उपद्रव.

complicity (n) वायट करणेंत भागिदारी.

compliment (n) तारीफ; तुस्त; तोखणाय; • **compliments** (n) अभिनंदन; शुभकामना; • **complimentary** (adj) मोगाची, भोवमानाची भेट कशी; मानार्थी.

comply (v) मानप; नेमांक धरून वागप; पाळो दिवप; इत्सेक धरून काम करप.

component (n) घटक; भाग; अंश; वांटो; आंग; अवयव.

compose (v) बरोवप; घडोवप; रचप; □ वाद, झगडें पालोवप; □ छापणावळीचे खिळे जुळोवप; • **composer** (n) संगीतकार; • **composition** (n) साहित्य वा हेर रचना; □ पालोवणी; • छापखान्यांतल्या टायपाची जुळवण; • **compositor** (n) (घो) कंपोझिटर; □ छापखान्यांतलो जुळारी.

compost (n) सार्‍याखातीर एकठांय केल्लो पत्रो, पालो, शेण वी; भरस.

composure (n) मनाची सस्ताय; धंडाय; शांतताय; धिराय; संतुळा.

compound (n) भरस; □ जोड (उतर); (व्याकरणी) जोडणी; □ दुरगाचें आंगण; • (v) (वखदाचे घटक) भरसप; आसा तें वाडोवप; चड किचकटीचें करप; □ किजील वी पालोवप; तडजोड करप; रीण मारप; पयशे घेवन माफ करप; • **compound**

interest (n) चक्रवाड व्याज; • **compounder (n)** (घो) कंपावंडर; वैजाचे नदरेखाला वखदां घोळोवन दिवपी.

comprehend (v) समजप; जाणा जावप; उमजप; थाव लागप; गर्भीत अर्थ कळप; • **comprehension (n)** समजणी; आकलन; उमजणी.

comprehensive (adj) व्यापक; विस्तारीत; जातूंत जायतें आयलां असो (ग्रंथ).

compress (v) दामप; आंवळप; सरांटून एकवठावप.

comprise (v) (घटकांचे मेळून) घडप.

compromise (n) तडजोड; समजाविशी; मध्यम मार्ग; • **(v)** वाद-झगडें पालोवप; समजाविशी घडोवन हाडप; तडजोड करप; काबासांव करप; □ (आपल्या बेजबाबदार कर्तुपान) संकशटांत घालप; दुबाव निर्माण करप.

compulsion (n) जबरदस्ती; जुलूम; सक्ती; • **compulsory (adj)** गरजेचो; सक्तीचो; लागणुकेचो; □ कायद्यान सांगिल्लो.

compunction (n) पच्छताप; मनस्ताप; खंत; काकूट; संताप; भीड-मुर्वत.

compute (v) कंप्यूटराच्या आधारान प्रस्न सोडोवप; कंप्यूटराचो आधार घेवप, गणीत करप बी; • **computer (n)** (घो) कंप्यूटर; गणकयंत्र; संगणक.

comrade (n) सांगाती; वांगडी; □ कम्युनिस्ट पक्षाचो वांगडी; कामगार संघटनेचो सभासद.

concave (adj) वाटकुळसार; भितल्ल्यान वाटकुळसाण आशिल्लो; अंतर्गोल.

conceal (v) लिपोवप; गुपीत दवरप.

concede (v) (हार) मानप; (पयलीं ना म्हणून मागीर) मान्य करप; (अधिकार) दिवप.

conceit (n) अहंकार; हांवपण; आपणें आपणाक चड बुदवंत मानपाची वृत्ती.

conceive (v) कल्पना सुचप; येवजप; भावार्थ दवरप; □ गुरवार जावप; गर्भ धरप.

concentrate (v) लक्ष केंद्रीत करप; एकचित्त जावप; • **concentrated solution (n)** अगळ; सार; • **concentration (n)** एकाग्रताय; □ केंद्रीकरण; □ लोकांचो जमो; खेट; तांडी; • **concentration camp (n)** झूजबंद्यांक एकठांय दवरपाचें मळ; रेवडायल्ली सुवात.

concept (n) संकल्पना; येवजण; विचार; • **conception (n)** रुजवण; जल्म; □ येवजण; समज; □ गर्भधारणा; गुरवचार.

concern (n) संबंद; नातें; लागपी विशय; □ चिंता; हुसको; जायणी; □ अगत्य; लकतुबाय; □ व्यापारी घर; कंपनी; • **(v)** संबंद दवरप; संबंद आसप; वांटो घेवप; • **concerning (prep)** (ताचे) संबंदान; विशीं.

concert (n) गायन वा संगिताचो कार्यक्रम; जलसो; • **concerted effort (n)** वांगडा रावन पोटतिडकेन केल्लो प्रयत्न.

concession (n) सूट; खास सवलत; □ वापरूंक दिल्ली वस्त (खण, जमीन बी).

conch (n) शंख.

conciliate (v) आपलेपण जोडप; (झगडें) पासप; मेळ घडोवन हाडप; • **conciliation (n)** घडोवन हाडिल्लो मेळ; तडजोड; समेट.

concise (adj) संक्षिप्त; जाय तितली; गरजेचे म्हायतीन आटापिल्ली; • **concise dictionary (n)** संक्षिप्त शब्दकोश.

conclave (n) गुमानीत बसका; □ नवो

पापसायब वेंचून काडुंक कार्दिनालांची जाता ती गुप्त बसका.

conclude (v) सोंपप; सोंपोवप; निर्णयार पावप; थारावप; □ (वावर) पुराय करप; समजाविशी घडोवन हाडप; • **conclusion** (n) अखेर; सार; आटापणी; निश्कर्ष; समागेप; • **conclusive** (adj) खात्रीचो; दुबावापेलो; निमाणो; निर्णायक.

concoct (v) आडकां-नाडकां करप; चिकान रचप; नवी येवजण चलोवप; (फटींची खबर) घडोवन सांगप; रचप.

concord (n) एकवट; एकमत; सूरमेळ; बरेपण; इश्टागत; अनुरूपताय; सायमगीनपण; □ राश्ट्रांगश्ट्रामदीं बरेपणान रावपाची थारावणी; एकमत.

concordat (n) वैटिकन (कैथलीक चर्च) आनी हेर देसामदीं हिताची थारावणी.

concourse (n) खेट; गर्दी; लोकांचो उरपंब; जमो; □ व्हड मळ.

concrete (adj) साग्ट; खात्रीचो; प्रत्यक्ष आशिल्लो; जसो आसा तसो; अणभवाचो; • (n) खडी; रेव आनी शिमींट हांचो भरम; (पो) कॉंक्रीट.

concur (v) मत जुळप; मान्य करप; सागात दिवप; एकाच वेळार चडकडेन घडप; • **concurrence** (n) एकमत; मान्यताय; एकाच वेळार दुसरकडेन घडिल्ली गजाल; • **concurrent** (adj) एकेच तेरेचो; जुळटो; वांगडचो.

condemn (v) दोश दिवप; गुन्यावगार थारावप; नापसंती परगटावप; □ क्यास्त फर्मावप; □ वायट अवस्था फावो जावप; दर्शेत सांपडप.

condense (v) (दूद) आटोवप; सार काडप; संक्षिप्त करप; □ वायूचे पातळ पदार्थांत रूपांतर जावप; □ जें लांबलचक आसा तें थोड्याच उतरांनी मांडप.

condescend (v) लहानविकायेन वागप; मायेमोगान चलप; मारतें घेवप.

condign (adj) जिस्ताजिस्त; फावो सारको; यथायोग्य; जथापथ.

condiment (n) (गंदपाचें) आयतें; मीठ-मिरसांग; जिरें-मिरी; सांबार; मसालो.

condition (n) अवस्था; स्थिती; गत; दशा; आवतिकाय; परिस्थिती; □ अट; नेम; • (v) आपणाक जाय ते स्थितींत हाडप; अमकेंच काम करूंक वा दिवंक तयार करप; संवय लावप; अट लादप; मत (बुद्द) घडोवप; • **conditional** (adj) अटींच्या बंधनांत आशिल्लो; अटीन बांदिल्लो; सशर्त; • **conditional release** अटी घालून सुटका; काय अटींचेर केल्ली सुटका.

condole (v) वुजवण दिवप; दुस्ख परगटावप; समवेदना उकतावप; • **condolence** (n) वुजवण; दुस्खाचें निवाण; • **condolence meeting**: दुस्ख परगटावक सभा; समवेदना व्यक्त करूंक सभा.

condone (v) भगसप, माफी करप; दुर्लक्ष करप; उवेखप.

conduce (v) उपकरप; परिणाम येवंक मजत करप.

conduct (n) आचार; चलणूक; रीतभांस; • (v) हाताळप; (कार्यांवळ) चलोवप; व्यापार-वेंव्हार चलोवप; वागप; • **conductor** (n) (पो) कंडक्टर; बसींनी बो तिकेटी विकपी; □ कार्यांवळ चलोवपी; □ विजेचो वा उश्णतायेचो वाहक.

conduit (n) (जांतल्यान कितेंय व्हरूं येता वा वचूं येता असो) नळ; नळी; पायप; • **conduit pipe** (n) वीजेची सरी बी व्हरपाचो पायप; वाहक.

cone (n) शंख; सुळको; तोंकाची ऊंचाट.

confabulate (v) गजाली करप; चकाटां मारप.

confectioner (n) फळार, मिठाई बी करपी; • **confectionery (n)** चॉकलेटी, मिठाई बी; □ मिठाई, चॉकलेटीचें बी दुकान.

confederation (n) (राष्ट्रांचो) संघ; राज्यसंघ; राजकी घटकांचो एकवट; आघाडी.

confer (v) (पदवी, बिरूद बी) प्रदान करप; ओंपप; □ चर्चा करप; संमेलन घडोवन हाडप; • **conference (n)** अधिवेशन; परिशद; संमेलन; नेमान घेतिल्ली सभा; □ चर्चेपासत बसका.

confess (v) (गुन्याव, चूक, पातक) मान्य करप; □ (क्रिस्तांवांत) पाद्रीकडेन 'कुमसार' जावप; □ पातक, चूक वा गुन्याव केला म्हणून मान्य करप; • **confession (n)** गुन्यावाची कबुली; कबुली-जबाब; पातक केल्ल्याचें सांगप.

confidant (n) भरवंशाचो इश्ट; • **confide (v)** खासगी गजाली सांगप; सूख-दुख्खाच्यो खबरी करप; पातयेवप; विस्वास दवरप; सांबाळून दवरपाखातीर एकादरी वस्त बी दिवप; • **confidence (n)** भरवंसो; विस्वास; खातरी; □ आत्मविस्वास; धाडस; • **confident (adj)** जाची खात्री जाल्या असो; जाका पुराय विस्वास दिसता असो; भरवंशाचो; □ धाडशी; • **confidential (adj)** विस्वासू; □ गुपीत; गुमानीत; खासगत (उलोवप, बरोवप).

configuration (n) मांडावळ; घडण; रुपकार; आकृताय; आकार; विंगड-विंगड घटकांचो एकवटीत कामापासत केल्लो पुंजो.

confine (v) बंधनांत दवरप; बंदिस्त करप; शिमेभितर दवरप; • **confine to bed:** हांतरूण धरप; • **confines (n)** शीम; मेर; सराद; बंधन; • **confinement (n)** बंधन; बंदखण; बंदिस्त अवस्था; □ बांयटेराचो काळ.

confirm (v) खात्री करून दिवप; घटसाण हाडप; फाटबळ भासावप; प्रमाणीत करप; म्होर मारप; • **confirmation (n)** मान्यताय; पुश्टी; हयकार; प्रत्यय; खात्री.

confiscate (v) (सरकारी फर्मानाप्रमाण) जप्त करप; काडून घेवप; • **confiscation (n)** जप्ती.

conflagration (n) उज्यान मांडिल्लो आकांत; मातयल्लो हाहाक्कार.

conflict (n) किजील; वितुश्ट; वायटपण; हितसंबंदांक विरोध; • **(v)** आड येवप; विरोधांत रावप; झगडप.

confluence (n) (न्हंयांचो) संगम; मेळपाची सुवात; • लोकाचो जमो.

conform (v) चालंत नेमांक धरून वागप; परंपरेक दसून रावप; □ चलणूक उजू दवरप; • **conformity (n)** समाजमान्य चालींक पाळो; □ अनुरुपताय; सारकाय.

confound (v) अजापांत घालप; गोंदळावप; घुसपावप; चाळांत घालप.

confront (v) उतराक उतर दिवप; तोंडाक लागप; सामकार उबो रावप; रुजवात करप; □ शिमेक तेंकून आसप वा रावप; • **confrontation (n)** मुकाबलो; टक्कर; तोंडाक तोंड लागप.

confuse (v) गोंदळप; कायलोळ्यो करप; गोंदळावप; घुसपप; घुसपावप; गणमणप; • **confusion (n)** घुसपागोंदळ; दुमाडी; आकूळ पिकूळ अवस्था.

congenial (adj) सारको; एकेच तरेचो; एकाच सभावाचो; फावोसो; जुळटा तसलो; बरेपणाचो.

congest (v) गचमुड्डी करप; हिसपाभायर गर्दी करप; लूट जावप; □ नाक चोंदप;

तूंब चोंदप; • **congestion (n)** खेट; गर्दी; दाटी; गचमुड्डी; लोकाची लूट; □ चोंदिल्ली अवस्था (तुंबाची बी).

conglomerate (n) वाटकुळी रास करप; राशीर काडप.

congratulate (v) परबी दिवप; अभिनंदन करप; खोस, तोखणाय परगटावप; • **congratulations (n)** परबी; अभिनंदन.

congregate (v) एके सुवातेर जमप; जमोवप; सभेपासत एकठांय येवप; देवस्थानाखातीर, प्रार्थनेखातीर देवळांत जमप; • **congregation (n)** देवळांत एकठावल्लो लोक; धर्मीक कारणाक लागून जमा जाल्लो लोक

congress (n) (खाशेल्या वावरापासत) सभा; संमेलन; □ संस्था; □ भारतांतलो कॉंग्रेस नांवाचो गजकी पक्ष; (घो) कॉंग्रेस.

congruent (adj) जुळमारको; फावोसो; सम आकाराचो; वयर दवरतकूच चप्प बसमारके (थांपणें); • **congruous (adj)** जथापथ; जिस्ताजिस्त; फावोसो.

conic (adj) सुळको कसो; शंखूच्या आकाराचो; उबारेन तोंकाचो.

conjecture (n) अदमास; सुमार; पारखणें; तर्क; □ अदकुटे म्हायतीचेर आधारिल्लें मत; • **(v)** अदमास करप; सुमार करप; तर्जप.

conjoin (v) जोडप; मेळप; मेळोवप; जथप; एकठावप; भरसप.

conjugal (adj) लग्नासंबंदीत; घोव-बायले संबंदीत; दांपत्याविशीं.

conjugate (v) क्रियापदाचें रूप जाय तशें चलोवप; जुळोवप.

conjunction (n) जोडणी; जुळोवणी; युती; □ व्याकरणांतलें उभयान्वयी अव्यय.

conjunctivitis (n) दोळे येवचेली पिडा.

conjuncture (n) योग; प्रसंग; संकश्ट.

conjure (v) हात हालोवन चमत्कार करप; बिबूत तयार करप; जादू करप; • **(v)** सांपूत घेवन सांगप; गळवज्ञा येवप; नमळायेन मागणें करप; • **conjuror (n)** जादूगार; इंद्रजाल करपी; करणी करपी मनीस.

conk (v) तकलेर वा नाकार मूठ मारप; • **(n)** तकली वा नाक; • **conk out (v)** यंत्र बंद पडप; घुंवळ येवन पडून मनीस मरप.

connate (adj) सैमीक; सभावीक; एकेच चालीचो.

connatural (adj) सैमान सारको; एकाच वर्गणाचो.

connect (v) जोडप; मेटप; तेंकोवप; तेंकप; □ एकठांय हाडप; नातें सांगप; • **connection (n)** नातें; संबद; सोयरीक; जोडणी; □ (घो) कनेक्शन (टेलिफोनाचें; विजेचें; फुडले बसीचें वा गाडयेचें).

connivance (n) संगनमत; गुडुइलसांव; कारस्थान; पोटयां दिल्लें फाटबळ; • **connive (v)** पळोवन पळयनाशिल्ले भाशेन करप; अप्रत्यक्ष हातभार लावप; पोटयां फाटबळ दिवप.

connoisseur (n) कलेचो आस्वाद घेवपी; कला-पारखी; कलेचो जाणकार; कला-रसीक.

connote (v) जुळप; सारकाय आसप; चालंताभायर दुसरो अर्थ लावप; • **connotation (n)** शब्दार्थाखेरीज दुसरो चालंत अर्थ.

conquer (v) प्रदेश जिखप; मन बी जिखप; जैत जोडप; हारोवप; □ कठिणाय बालांडप; दुसऱ्याची आसपत बळान घेवप; • **conqueror (n)** जिखपी; जैतवंत;

जयवंत; • **conquest (n)** जीख; जिखिल्लो प्रदेश वा जें झुजून जिखलां तें; जिखिल्लो म्हालवज.

conscience (n) अंतस्कर्ण; मन; □ चलपांतलें उजूपण; • बरी बुद्द; • **conscientious (adj)** चलणुकेन उजू; अंतरात्म्याक मानपी; लागणुकेक पाळो दिवपी; • **conscious (adj)** जाण आशिल्लो; सादर; साबुद्दीर आशिल्लो; • **consciousness (n)** समजिकाय; जाणविकाय; सयराण; सुद्द; जाण.

conscript (adj) सैन्यांत जबरीन भरती केल्लो; • **conscription (n)** सक्तीची सैन्यभरती.

consecrate (v) (जिवीत) देवाचे सेवेक समर्पण करप, ओंपप; • **consecration (n)** (देवाचे सेवेक) समर्पण.

consecutive (adj) लागून; क्रमान; एका फाटल्यान एक.

consensus (n) सगल्यांची मान्यताय; एकमत.

consent (n) मान्यताय; परवानगी; • **(v)** मान्यताय दिवप; मान्य जावप; हयकार दिवप.

consequence (n) परिणाम; फळ; धारावणी; मान-भोवमान; • **consequently (adv)** देखून; परिणामी; फळ म्हणून; हाका लागून.

conservation (n) सांबाळ; राखण; तगवणी; जतनाय; • **conservator (n)** राखणदार; सांबाळपी; जतनाय घेवपी; • **conserve (v)** सांबाळप; तगोवप; इबाडापासून राखप; • **(n)** मुरांबो, हालवो बी खाणां.

conservative (adj) रुढीवादी; परंपरावादी; सुधारणांक विरोध करपी.

conservatoire (n) संगीत (वा हेर कलांचें) विद्यालय.

consider (v) बारीकसाणेन येवजप; ध्यानांत घेवप; नियाळप; लेखप; • **considerable (adj)** मानादीक; म्हत्व फावता असो; □ बरोच चड; • **considerate (adj)** (बरें वायट) येवजुपी; दुसऱ्याचो मान राखपी; दुसऱ्याक लुसकान वा अडचण जावचिना हाची जतनाय घेवपी; • **consideration (n)** बारिकसाणेन केल्लो विचार; नियाळ; योग्यताय; □ मोल.

consign (v) सुवादीन करप; दिवन मेकळो जावप; □ धाडप; • **consignment (n)** धाडपाचो वा धाडिल्लो म्हाल; • **consign to flames:** उज्यासुवादीन करप; लासप (प्रेत बी); • **consignee (n)** जाका म्हाल धाडला तो; • **consignor (n)** जाणें म्हाल धाडला तो.

consist of (v) (अमकेच वस्तू वा तत्वांचो) घडिल्लो आसप; • **consist in (v)** आधारिल्लो आसप.

consistency (n) घटाय; धिटाय; तग धरपाची तांक; सुसंगतपण; • **consistent (adj)** तत्वान थीर; एकेच चालीचो; तग धरून रावपी; सुसंगत.

consolation (n) बुजवण; दुख्खाच्या वेळार दिल्ली घटाय; • **console (v)** बुजवण दिवप; घटाय दिवप.

consolidate (v) (हातांत आयिल्लें) घट करप; थीर करप; (स्थान) वचचेंना अशी बंदिस्ती करप; □ शिपडून आशिल्लें एक करप.

consonance (n) मेळ; समजिकाय.

consort (n) राज्य करपी राजाची बायल वा राणयेचो घोव; एकामेकांचे सांगाती (घोव-बायल); □ बोटी सांगाता रावपी

दुसरी बोट; • (v) संबंद दवरप; वांगडा रावप; सायसंगीत रावप; □ कोणालेय संगतींत रावप.

consortium (n) भांडवलदारांची संघटना; मोठ्या व्यापाऱ्यांची संस्था.

conspectus (n) अदमासान आंखिल्ली येवजण; रुपकार; आराखडो; तर्जुमो; सक्षेप.

conspicuous (adj) नदरेंत भरसारको; लक्षांत येवपासारको; जाणवता असो; स्पष्ट; • **conspicuous by absence** (adj) गैरहजेरीक लागून लक्षांत आयिल्लो.

conspiracy (n) कूट; कारस्थान; सरकाराआड बंडाची गुपीत तयारी; • **conspirator** (n) बंडाची तयारी करपी, कूट, कारस्थान रचपी; • **conspire** (v) कूट रचप; • बंडाची आखणी करप; कारस्थानांत वांटो घेवप.

constable (n) (घो) कॉन्स्टेबल; पोलीस शिपाय.

constancy (n) थिराय, चिकाटी; घट थारावणी; विश्वासूपण; कसलेय काम घेवन ते करपाची वृत्ती; • **constant** (adj) थीर; बदलना असो, चिकाटीचो, विश्वास दवरपासारको; धरसोड न्हय असो, वांगडा रावपी; □ लागून, सतत (बडबडपी).

constellation (n) नक्षत्र-पुंजी; □ गिरावळ; □ व्हर्डविकेक पाविल्ल्या लोकांची नामावळ.

consternation (n) गंदिळ; तिरपीट; धांवाधांव; आकांत; उचांबळाय.

constipation (n) कोठ्याची पिडा; मलावरोध.

constituency (n) मतदारसंघ; संघातले मतदार; वाड्याचे मतदार; • **constituent** (n) घटक; मतदार; नागरीक; • **constitute** (v) घडप; रचप; (संस्था) स्थापन करप; घटक जावप वा आसप.

constitution (n) संविधान; देशाची घटना; संस्थेची घटना; नेमावळ; घडण; □ आंगलोट; जायेस; • **constitutional** (adj) संविधानीक; घटनात्मक; नेमांक धरून केल्लो.

constrain (v) बळान काम करून घेवप; बळाचो उपेग करून आडावप; बंदिस्त दवरप; □ परिस्थितीचे कातरीत सांपडप; ताण पडप; परिस्थितीन लाचार करप; भार घालप; • **constraint** (n) परिस्थितीक लागून आयिल्ले आडमेळ; □ लाचारपण; बंधन; जाल्ली बळजबरी; पडिल्ली भीड.

constrict (v) अदप; आंवळप; चरांटून बांदप; चेपप; घट करप.

construct (v) (घर बी) बांदप; (वाक्य) रचप; भाग एकठावप; • **construction** (n) रचना; बांदावळ; कसलीय वास्तू बांदपाचें काम; □ वाक्याची घडण; • **constructive** (adj) रचनात्मक; विधायक; बांदावळीचो (वावर).

construe (n) अर्थ काडप; अर्थ सांगप; वाक्य रचप.

consul (n) (घो) कॉसूल; वाणिज्य दूत; एका देशान दुसऱ्या देशांत नेमिल्लो व्यापारी प्रतिनिधी; • **consulate** (n) व्यापारी दुताचें कार्यालय.

consult (v) सल्लो घेवप; मत (बुद्द) घेवप; आपसांत चर्चा करप; भावना लक्षांत घेवप; • **consultant** (n) सल्लो दिवपी; बुद्द दिवपी; सल्लागार; • **consultation** (n) सल्लो; चर्चा; विचारविनिमय; • **consulting room** (n) वैजाचो दवाखानो.

consume (v) खावप; पियेवप; भक्षण करप; खर्चप; वापरप; • **consumer** (n) गिरायक; गरजेच्या जिनसांचो उपेग करपी; • **consumerism** (n)

गिरायकाच्या हिताची राखण, हिताक फाटबळ; • **consumption (n)** खप; खर्च; उपेग; उपभोग; जिनसांचो वापर.

consummate (v) पुराय करप; • **(adj)** फिशाल; कसबी; प्रवीण.

contact (n) संपर्क; संबंद; संसर्ग; स्पर्श; लागण; वसो; • **(v)** संपर्क सादप; स्पर्श करप, लागप; संबंद जोडप; लागण जावप.

contagious (adj) वशाची (पिडा); बादता तसली; संसर्गाची; लागीक.

contain (v) आसपावन घेवप; आडावन दवरप; तावो दवरप; • **container (n)** आयदन; फोलीण; कास.

contaminate (v) प्रदुशीत करप; इबाडप; म्हेळें करप; म्हेळें जावप; बादा जावप.

contemplate (v) ध्यान करप; चिंतन करप; बेत आंखप; • **contemplation (n)** ध्यान; चिंतन; अत्रेक.

contemporary (adj) समकालीन; एकाच काळांतलो; चालू जमान्यांतलो; रितीन आधुनीक.

contempt (n) तिरस्कार; अखटाय; अपमान (कोर्टाचो); • **contemptible (adj)** उणाक लेखीसारको; तिरस्कार करपासारको.

contend (v) (मेळोवपाखातीर) झगडप; संघर्श करप; सर्तींत वांटो घेवप; आपलें अस्तित्व दाखोवप.

content (adj) धादोशी; समाधानी; तृप्त; • **(n)** कित्यांतूय भितर कितें आसा तें (काशींत, पुस्तकांत, घरांत); • **contents (n)** अनुक्रमणिका; • **contented (adj)** संतुष्ट; आनंदीत; समाधानी.

contention (n) दावो; म्हणणें; □ वाद; भासाभास; हुज्जत; झगडें; सर्त; होड.

contest (n) सर्त; स्पर्धा; जैतापासत संघर्श; वेंचणूक; • **(v)** स्पर्धेंत वांटो घेवप; वेंचणुकेक उबो रावप; • **contestant (n)** उमेदवार; सर्तींत वांटो घेवपी.

context (n) संदर्भ; फाटभूंय.

contiguity (n) लागसारपण; शेजार; • **contiguous (adj)** शिमेक लागून आशिल्लो; शेजारचो; लागशिल्लो.

continence (n) आत्मसंयम; ब्रह्मचर्य; पवित्रता.

continent (n) भूंयखंड (अमेरिका, आशिया, युरोप बी).

contingency (n) ऐन वेळावयली घडणूक; अचकीत घडिल्ली गजाल; जाल्लो खर्च; • **contingency fund (n)** गरजे-ताकतिकेखातीर निधी.

continuation (n) चलती स्थिती; फुडली वाटचाल; बाकी बांदावळीची वाड; • **continue (v)** करीत रावप; चालू दवरप; चलयत रावप; • **continuous (adj)** अखंडीत; लागून; बंद पडनासतना चलतलो.

contort (v) घुंवडावप; पिवळप; पिळप; चालू आकार बदलप; रूप इबाडप.

contour (n) रुपकार; आकृताय; आंगलोट; आंगवटो; भोंवतणची ओळ.

contraband (n) चोरून देशांत हाडिल्ल्यो वा भायर धाडिल्ल्यो वस्तू; स्मगलिंगाचो म्हाल; • **(adj)** निर्यात वा आयात करूंक मनाय केल्लो (म्हाल).

contract (n) (घो) कंत्राट; करार; कबलात; उतर; • **(v)** कबलात करप; थारावप; □ आंवळप; ल्हान करप; • **contractor (n)** (घो) कॉंट्रेक्टर; वावर आंगार घेवपी; कंत्राटकार.

contradict (v) ना म्हणप; आड उलोवप; दुसरो उलयता तें चूक म्हणप; प्रतिवाद करप; • **contradictory (adj)** जुळना

असो; उरफाटो; आड; विपरीत.

contrary (adj) आड; उरफाटो; परतो; विरोधी; □ उपकरना असो; • **(n)** उरफाटी गजाल.

contrast (n) नदरेंत भरसारको समान वस्तूंतलो फरक; अंतर; तफावत; परस्पर विरोध; असमानताय; □ चड उणें प्रमाण; □ कसवटणी; • **(v)** चड तफावत आसप; परस्पर विरोध दाखोवप; समान वस्तूंतलें अंतर पारखूंक शेजरा-शेजरा वस्तू दवरप; फरक कळप.

contravene (v) (कायदो) मोडप; हुपप; बालांडप; • **contravention (n)** कायदो-नेम मोडप; आड वचप; उल्लंघन.

contribute (v) (बऱ्या वावराक) पटी दिवप; मजत करप; फाटबळ दिवप; वुद्द दिवप; □ पत्राचेर, नेमाल्याचेर लेख बरोवप; • **contribution (n)** देणगी; पटी; मजत; फाटबळ; • (नेमाल्याक) बरपा, लेख.

contrite (adj) गुन्हाव केल्ल्याची जाणवीक बाळगुपी; पच्छताप करपी; खंती; दुखेस्त.

contrivance (n) खास घडयल्ले आवत; □ नाडवुद्दर; □ क्लृप्ती; खूबी; शिकमत; • **contrive (v)** माडणी करप; नाडवुद्द चलोवप; □ कारण जावप.

control (n) ताबो; शेक; सत्या; सत्ता; □ संयम; विवेक; आवरणें; नियंत्रण; • **(v)** नियंत्रणांत दवरप; शेकातळा दवरप; सांबाळप; • **controller (n)** नियत्रणाखालना दवरपी; ताब्यांत दवरपी; नियंत्रक.

controversial (adj) वादाची (गजाल); आरते-परते चर्चेचो (विशय); • **controversy (n)** वाद; आरती-परती चर्चा; किजील.

controvert (v) वादांत दुसरी बाजू घेवप; उरफाटें मत मांडप; विरोध करप.

contumacy (n) अपमान; अवज्ञा; हट; दुराग्रह; उर्मटाय.

contumely (n) गाळ; वायट उतर; चार-चौगां हुजरां अपमान.

contuse (v) निळो पडसर मोनो मार दिवप; • **contusion (n)** मोनो मार.

conundrum (n) उमार्णे; कुवाडें (विनोदी जापेचें).

convalesce (v) पिडेक उतार पडप; शस्त्रक्रिये उपरांत बलायकी पूर्वपदार येवप; बलायकी निवळ्ळे उपरांत विसव घेवप; वाऱ्याक वचप.

convene (v) सभेखातीर लोकांक, वांगड्याक आपोवप; सभा आपोवप, घेवप; जमप; • **convenor (n)** सभेचो, बसकेचो निमंत्रक.

convenience (n) सवड; सोंपेपण; वेवस्था; फायदो; हीत.

convent (n) (घो) कॉंवेंट; मादींची रावतिका; आश्रम; मठ; • **convent school (n)** मादी चलयतात तें विद्यालय.

convention (n) सभा; संमेलन; परिशद; □ रीत-रवीस; रिवाज; चाल; प्रथा.

converge (v) एके मुखांतर मेळप; जमप; सगळ्या दिशांतल्यान एका धळार (लोकान) जमप.

conversable (adj) तोंडभर उलोवपी; रुचीक गजाली सांगपी; झांकड्यो मारपी; □ चार-चौगांतलो; • **conversant (adj)** अणभवी; जाणकार; फिशाल; संवकळ आशिल्लो; • **conversation (n)** गजाली; चर्चा; भाषाभास; • **converse (v)** गजाली करप; चर्चा करप; • **(adj)** उरफाटो; दुसरे वटेनचो; • **conversion (n)** परिवर्तन; बदल; □ धर्मांतर; परिवर्तन; दुसऱ्या धर्मांत वचप; □ मत, धर्म परिवर्तन;

WORLD KONKANI CENTRE 655

मतांत जाल्लो बदल; □ दुसऱ्या चलनांत केल्लो बदल (रुपयांचे डॉलर करप); • **convert (v)** बदलप; सुधारप; □ धर्म बदलप; दुसऱ्यांत धर्म-बदल घडोवप; • **(n)** जाणें धर्म बदल्ला तो.

convex (adj) उबार; पोटफुगो; फुगरो; भायल्यान वाटकुळसाण आशिल्लो.

convey (v) व्हरप; घेवन वचप; पावोवप; सुवादीन करप; (निरोप) पावतो करप; □ अर्थ सांगप.

conveyance (n) वाहन; वचपाची वा व्हरपाची गाडी; □ हस्तांतरण; धनीपणांत कायद्यान केल्लो बदल; • **conveyor (n)** व्यक्ती वा वस्त व्हरपी; पावोवपी; □ वाहन.

convict (n) गुन्यावगार म्हण थारिल्लो; दोशी म्हण सिद्द जाल्लो; • **(v)** ख्यास्त लावप; गुन्याव सिद्द करप; • **conviction (n)** खात्री; पटिल्लें मत; □ गुन्यावाची ख्यास्त (न्यायालयान दिल्ली).

convince (v) पटोवप; पटोवपाचो यत्न करप; □ खात्री दिवप; पारासप; □ सत्य समजून घेवप; • **convincible (adj)** पटपासारको; पातयेवपासारको; भरवंशाचो.

convivial (adj) चारचौगांत रावपाची आवड आशिल्लो; □ खोशयेचो; परबेचो; सुवाळ्याचो.

convocation (n) दिक्षांत समारंभ; धर्मीक संमेलन; शिकिल्ल्या सवरलेल्यांची व्हड सभा; • **convoke (v)** सभा संमेलन आपोवप.

convoluted (adj) कोनाळ्याचो; वेटाळ्याचो; बागयल्लो; किचकटीचो; घुसपणेचो.

convoy (n) कारवान; तांडो; एकामेका-सांगातान वचपी गाडयो; राखणेखाला वचपी म्हालाचीं तारवां; सांगाताक दिल्ले शिपाय; राखणे-दळ.

convulse (v) मल्लूक मारप; मोडणें मारप; आंकडेवप; □ खवदळप; □ पेंडके फुटसर हांसप; • **convulsion (n)** मल्लूक; मोडणें; □ झटको; □ (हासपाचे) पेंडके.

cony, coney (n) सोंसो; सोशाचें चाम.

coo (v) पारव्यांचें रडप; गुटुर्र गुटुर्र करप; □ फुतफुतून मोगानें उलोवप.

cook (v) रांदप; शिजोवप; शिजप; • **(n)** रांदपी; • **cooker (n)** (घो) कूकर; रांदपाचें धांकण्याचें आयदन; □ सानन-धांकणो; • **cookery (n)** रांदपाची कला; पाकशास्त्र; • **cook-up (v)** कूट करप; (कारस्थान) शिजोवप, शिजप.

cookie (n) एक बिस्कूत.

cool (adj) थंड; शितळ; शांत; □ किण्ण; □ वोगी; मख्ख; • **cooler (n)** (घो) कूलर; उदक थंड करपी साधन; भोंवतण थंड करपी यंत्र.

coolie, cooly (n) (घो) कुली; मानाय; भाडेली; ओजेली; भाडेल (बायल-मनीस).

coomb (n) दोंगराकुशींतली घळ; न्हंयेकुशींतलो घळीचो वाटार.

coop (n) कोंबयां-घूड; □ बंदखणीची कोठी.

cooper (n) बल्लां करपी वा दुरुस्त करपी.

co-operate (v) सांगातान वावरप; सांगात दिवप; सहकार दिवप; मेळून काम करप; • **co-operation (n)** सहकार; सांगात; वांगड; • **co-operative (n)** सहकारी संस्था; सहकारी भांडार; सहकारी उद्देग; • **(adj)** सहकार दिवपी; सांगात दिवपी.

co-opt (v) समितींत नव्या वांगड्यांक आसपावन घेवप; • **co-opted (adj)**

स्वीकृत (वांगडी).

co-ordinate (adj) बराबरीचो; सारको; • **(v)** रितीन मांडावळ करप; निटायेन मांडप; मेळून काम करप; समन्वय घडोवप; समजाविशी घडोवन हाडप; ताळ-मेळ घडोवन हाडप.

cop (n) पोलीस; • **(v)** चोराक चोरतना धरप; अटक करप.

copartner (n) व्यापार-धंद्यांतलो भागी; भागीदार; □ सांगाती; वांगडी.

cope (v) बरे भाशेन चलोवप; तड गांठप; परिस्थितीक तोंड दिवन येस जोडप; बराबरी करप.

copier (n) (घो) कॉपियर; बरपाच्यो प्रती दिवपी यंत्र; □ जशाक तशें बरोवन काडपी बरपी; नकलवीस.

copious (adj) घसघशीत; घे म्हणून; उप्पट; जायतो; चकचयाळ; • **copiously (adv)** घसघस, भळभळ (व्हांवप).

copper (n) तांबे; तांब्याचें नाणें; • **copperplate (n)** तांब्या-पटो; • **copper utensils (n)** तांबावत; • **coppersmith (n)** कांसार; ताबटी; तांबावत करपी.

coppice (n) झील; झिलकूट.

copra (n) खोबरें; खोबऱ्याचें वळें; खोबऱ्याची वाटी; • **copra oil (n)** खोबरेल; नाल्लेल.

copy (n) जशाक तशी प्रत; तालीक; नक्कल; उतारो; □ छापूंक दिवचेली प्रत; • **(v)** उतारो काडप; तालीक काडप; □ परिक्षेत 'कॉपी' करप; • **copy-book (n)** पटी; चोपडी; कित्तो; • **copyist (n)** नकलवीस; बरपी; कॉपी करून दिवपी; • **copyright (n)** बरपावयलो कायद्यान अधिकार; स्वामित्व; मालकी हक.

coquette (v) (चलयेन, बायलेन) नखरे करप; लागोळपण करप; • **coquetry (n)** नखरे; आखे-तिखे; • **coquettish (adj)** लागोळी, नखरे करपी (बायल).

coral (n) पोवळें.

corbel (n) फुकटो; कचर.

cord (n) दोरी, सूम, राजू; □ स्वरतंतू; वाद्याची सरी; □ नाडी; शीर; • **cordage (n)** तारवांक लागपी बी राजू.

cordate (adj) (आकारान) काळजाभाशेन.

cordial (adj) (नातें) इश्टागतीचें; (इश्ट) जीवनकळेचो; मोयपाशी.

cordon (n) (पोलिसांनी घाल्लो) रेवाडो; □ सांखळ; वेश्टण.

corduroy (n) (घो) कॉर्डरॉय; पट्ट्यांचें विलोदी लुगट.

core (n) म्हत्वाचो भाग; गरोप; सार; • पृथ्वीचें अंतरंग.

co-religionist (adj) समानधर्मी; एकाच धर्माचे.

coriander (n) कोथमीर.

cork (n) गुड्डी; • **corkscrew (n)** साकारोल; गुड्डीकाडो.

corn (n) धान्य; □ गंव, मको बी; □ पायाक बी जाता ती किल्ली; खीण; • **cornflakes (n)** मक्याचे फोव; • **cornflour (n)** मक्याचें पीठ; गवांचें पीठ; मैदो.

cornea (n) दोळ्याचे बावलेवयलो पड्डो; बुबुळावयलो पड्डो.

corner (n) कोनसो; नाको; मोडण; □ कडेची सुवात; जंयच्यान पळूंक येता अशी सुवात; • **(v)** हारोवप; उतराक धरप; कूस मारूक येना अशी आवतिकाय करप. • **cornerstone (n)** बुनयादी फातर; मेरेचो, कोनशाचो फातर; □ म्हत्वाची व्यक्ती वा घडणी.

cornet (n) (घो) कोर्नेत; शींग; तुतारी; तुरतुरी; पेपारें.

cornice (n) वणटीची बेर; □ खांब्यावयलें हिरंगण; आडें.

corolla (n) पाकळ्यांनी व्यापिल्लो फुलाचो अंतर्भाग.

corollary (n) सिद्ध जाल्ली गजाल वा तत्व; म्हत्वाची आनी गरजेची थारावणी; अनुमान; सिद्धांत; परिणाम.

corona (n) सूर्य वा चंद्राची प्रभावळ; भोंवतणची फांक.

coronary (adj) काळजाक रगताची पुरवण करतले शिरेसंबंदीत; • **coronary thrombosis (n)** काळजाक रगताची पुरवण करतले शिरेंत आयिल्लें रगता-गुळ्याचें आडमेळें.

coronation (n) राज्याभिशेक; नव्या राजाक शिंवासनार बसोवपाचो सुवाळो.

coroner (n) (घो) कोरोनर; दुबावीत वा आडमरणाची सुर्वेची चवकशी करपी अधिकारी.

coronet (n) ल्हान मुकूट; माथ्याची मोतयां-आटी.

corporal (adj) देह वा कुडीसंबंदीत; शारीरिक; • **(n)** नायक.

corporate (adj) व्यापारी संस्था वा संघटनेचो.

corporation (n) महानगरपालिका; महामंडळ; आस्थापन; विंगड-विंगड एकवटीत घटक; वेव्हार चलोवपी संस्था.

corps (n) दळ; फौजेचे एकवटिल्ले कांय विभाग; खाशेल्या वावरापासत घडिल्लो पंगड; दल.

corpse (n) प्रेत; मडें; निर्जीव कूड.

corpulent (adj) आंगान मोटो; लठ्ठ; धोनयो; गाडगुलांव.

corpus (n) कित्याचोय मुखेल भाग वा गाबो; लेखकाचे वेंचीक बरपावळीचो संग्रह; एकादऱ्या वेंचीक विशयावयल्या बरपांचो संग्रह.

corral (n) गोठो; घोडवळ.

correct (adj) बराबर; सारकें; सत्य; • **(v)** तपासप; निवळावप; सुधारप; ख्यास्त लावप; • **correction (n)** तपासणी; □ निटावणी; दुरुस्ती; शुद्धी; संस्कार.

correlate (v) नातें जोडप; नातें आसप.

correspond (v) जुळोवप; बराबरी करप; □ पत्रवेव्हार चलोवप; चीट बरोवप; • **correspondence (n)** सारकाय; बराबरी; □ चिटीं-वेव्हार; पत्रवेव्हार; • **correspondent (n)** नेमान पत्रां बरोवपी; वर्तमानपत्राचो नेमिल्लो प्रतिनिधी; रेडियो, टीवीचो वार्तापत्रां धाडपी प्रतिनिधी.

corridor (n) घरांतली पायण; गाडयेंत बसकांमजगतची वा कुशींतली पायण; दोशींवटेन धड आशिल्ली अशीर वाट; आपले भुंयेंतल्यान वचपाक दुसऱ्या देशाक दिल्ली वाट.

corrigendum (n) शुद्धीपत्र; पुस्तकांतल्यो चुको दाखोवपी शेवटाक वा सुर्वेक आशिल्लें निवळावणे-पान; • **corrigible (adj)** निवळावं येत असो; सुधारूंक येत असो.

corroborate (v) पुश्टी दिवप; फाटबळ दिवप; समर्थन करप; • **corroboration (n)** पुश्टी; समर्थन.

corrode (v) कळमेवप; कोसमेवप; कुसकुसप; झिजप; खावप; • **corrosion (n)** कळम; कळमेवणी; कोसमेवणी.

corrugate (v) दोड पडप; मिरयो पडप; • घडयो घालप; • **corrugated (adj)** पनेळी.

corrupt (adj) कुशिल्लो; इबाडिल्लो; □ लांचखायरो; आचारभ्रश्ट; भ्रश्टाचारी;

खावगो; सरकारी काम करून दिवपाखातीर चोरयां पयशे घेवपी; • (v) इबाडप; कुसप; कुसोवप; • **corruption (n)** इबाड; विटकळणी; भेळशेवणी; □ खावगेपण; लंचखावड; भ्रश्टाचार.

corsage (n) बायलेन आंगार लायिल्लो फुलांचो ल्हान तुरो.

corset (n) बायलांचें अंतर्वस्त्र.

corslet (n) हड्डयावयलें लोखणी कव्हर; चिलखत.

cortege (n) यात्रा; अंत्ययात्रा; प्रेतयात्रा; निमणी यात्रा.

cortex (n) मेंदवाचो भायलो भाग; मुत्राशयावयलो पचकडो; □ झाडाची साल; वल्कल.

coruscate (v) चकचकप; झगझगप; परजळप; उजवाडाचो झोत सोडप.

coryza (n) तकलेक जाल्ली थंडी; नाक-व्हांवणें; नाकाक झरी लागप.

cosh (n) खराचो सोटो; • (v) माथ्यार सोटो मारप.

cosignatory (n) सांगातान निशाणी करपी (म्हत्वाच्या कागदाचेर).

cosmetic (adj) रुपाची, कांतीची, केंसाची सोबिताय वाडोवपी (सायित्य); • (n) वासाचीं तेलां, लेप, पो बी प्रसाधन सायित्य.

cosmopolitan (adj) संवसारभर भोंविल्लो; चारकडेन राविल्लो; संवसारीक नदरेचो; □ जंय ठायठायचे लोक रावतात अशी (सुवात). • **cosmopolitan city (n)** ठायठायचे लोक रावतात अशें शार.

cosmos (n) विश्व; ब्रह्मांड; • **cosmic (adj)** विश्वासंबंदीत; ब्रह्मांडासंबंदीत; □ अंतरिक्षयात्रेसंबंदीत; □ खूब व्हड; भव्य; मेजू नजो असो; • **cosmogony (n)** विश्वाचें मूळ; विश्वाची उत्पत्ती; हेविशीं सिद्धांत; • **cosmography (n)** ब्रह्मांड वर्णन (पृथ्वी धरून); • **cosmology (n)** विश्वाचो, ब्रह्मांडाचो अभ्यास; • **cosmonaut (n)** अंतरिक्षयात्री.

cosset (v) अतीं लाड करप; चड अपुर्बाय करप; माथ्यार घेवप.

cost (n) दर; मोल; पडटर; □ खर्च; तुसकान; त्याग; • (v) खर्च जावप; • **costs (n)** कायद्याचे बाबींचो खर्च; • **costly (adj)** मोलादीक; म्हाग.

costal (adj) कुशीचो; बरींचो.

costume (n) देश, कालमानाप्रमाण नेमण, भेस; खाशेल्या कामाखातीर घालपाचो भेस; • **costumier (n)** नाटकाचे मुस्तायकेचें दुकान वा मुस्तायकेचो दुकानदार.

cosy, cozy (adj) सुखदिणें; मायेची ऊब दिवपी; इश्टागतीचें; • (n) च्याचे किटलेवयलें तोपरें.

cot (n) खाट; बाज्ज; चौफाळो.

cote (n) पूड; शेवण्यांचो व्हड पांदरो; बोकडांचो गोठो.

coterie (n) हितसंबंदितांचो कंपू; चौकडी; एकेच आवडीच्या लोकांचो पंगड.

cottage (n) खोंप; गांवातलें सुपुल्लें घर; • **cottage industry (n)** कुटिरोद्योग; घरांत करपाचो ल्हान वेवसाय.

cotter (n) चावी; पाचर; (यंत्राचे भाग घट करपाची) मळसूद.

cotton (n) कापूस; कापशीण; कापसाचें सूत; सुताचें लुगट; • **cotton tree (n)** सावर, कापशीण; • **cotton comber (n)** कापूस पिंजारपी व्यक्ती वा आवत.

couch (n) (घो) कोच; सोफा; गादयेची लांब बसका; • (v) आड पडप; विसव घेवप; □ स्पश्ट सांगप; □ उडी घालपाचे तयारेंत बाग घेवन रावप.

cough (n) (घो) कफ; खांक; खोंकली; भरणें; • **(v)** हड्ड्यांत कफ जावप; खांकप.

council (n) सल्लागार समिती; प्रशासकीय समिती; मंडळ; • **municipal council (n)** नगरपालिका मंडळ; • **councillor (n)** नगरसेवक; मेजवांगडी; मंडळाचो सभासद.

counsel (n) बुद्द; मत; मसलत; सल्लो; □ कायदेशीर सल्लागार; वकील; • **counsellor (n)** सल्लागार.

count (n) मेजणी; बारणी; बेरीज; □ कलम; कारण; □ ध्यान; लक्ष; पर्वा; □ कावंट (इंग्लंडांतलें बी एक बिरूद); • **(v)** मेजप; बारप; हिसपाक धरप; एकांदर नग कितले तें जाणा जावप; • **countable (adj)** हिसबाक धरिसारको; पातयेवपासारको; मानूंक फावता असो; • **countdown (n)** उरफाटी मेजणी (धा, णव, आठ अशी); • **counting (n)** आंखणी; मेजणी; गणटी; • **countless (adj)** गणटेपेलो; खूब; मेजूंक कठीण इतलो; • **countless times (n)** हजार फावटी; मेजूंक कठीण इतलेदां.

countenance (n) नुरा; रूप; □ आशिर्वाद; नितीक फाटबळ; • **(v)** उमेद वाडोवप; फाटबळ दिवप.

counter (n) (घो) कावंटर; दुकानाची नाब; वेव्हाराचें मेज; बँकेचो दुडू दिवपा-घेवपाचो जागो; • **(adj)** उरफाटो; परतो; आड; • **(v)** विरोध करप; तोंड दिवप; प्रतिकार करप; आड वचप; • **(adv)** आड; • **counteract (v)** प्रतिकार करप; आड वचप; उरफाटें वागप; • **counter attack (n)** नेटाचो प्रतिहल्लो; फाट परतून घाल्ली घुरी; • **(v)** नेटाचो प्रतिहल्लो करप; • **counterfeit (adj)** लोकाक फटोवंक केल्लो जशाक तसो, नकली वा बनावटी (म्हाल); • **counterfeit notes (n)** बनावट नोटी; • **counterfoil (n)** पावतेचो वा कुपनाचो सांबाळून दवरपाचो वांटो; • **countermand (v)** फाटी घेवप; बातील करप; • **countermeasure (n)** प्रती उपाय; • **counter-productive (adj)** उरफाटो परिणाम घडोवपी; • **countersign (v)** दुसऱ्याचे निशाणेचें खरेपण दिवंक आपणें निशाणी करप.

country (n) देश; राष्ट्र; □ गांवगिरो वाटार; • **country life (n)** गांवगिरें जिवीत; सैमावांगडचें जिवीत.

coup d'état (n) अचकीत सत्तांतर.

couple (n) जोडें (घोव-बायल); खेळगड्यांची वा नाच करतल्यांची जोडी; □ (कांय, थोडे, दोन ह्या अर्थान) पुंजुलो; • **(v)** जोडयो करप; जोडप.

couplet (n) गितायें कडवें; दोहा.

coupling (n) जोड; सांदो; दोन नग जोडपी आंकडो; कडें; सांगडावपाचो गरो (रेल्वे डबे एकामेकांक जोडूंक वापरपाचो).

coupon (n) (घो) कुपन; कितेंय बरयल्लें वा छापिल्लें ल्हान कार्ड; तिकेट.

courage (n) धाडस; धिटाय; छाती; काळीज; कपशी; आत्मविस्वास; • **lose courage (v)** गळसणून वचप; • **courageous (adj)** धाडशी; धिरिश्ट; कपशेचो; भियेनाशिल्लो; धैर्यवंत.

courier (n) (घो) कुरीयर; पत्रां, पाकिटां बी दिल्ल्या नाम्यार पावोवपी; पायक; □ भोंवडेकारांचो सांगाती.

course (n) काळ; वेळ; दिशा; मार्ग; वाट; गती; चाल; □ शिक्षणीक पाठ्यक्रम; □ उदकाची व्हांवती; झोत; □ पांवडो;

□ (घो) कोर्स (वखदांचो, शिक्षणाचो बी).

court (n) (घो) कोर्ट; न्यायमंदिर; न्यायालय; मनसुबी करपाचें कार्यालय; □ दुरगान वा इमारतींनी रेवडायल्ली मेकळी सुवात; खेळांगण; • **court martial (n)** लस्करी न्यायालय; लस्करी न्यायालयामार्फतीन मनसुबी; • **courtyard (n)** भोंवतणी धांपिल्ले आंगण; आखाडो; घराचें आंगण.

courteous (adj) दुसऱ्याचो मान राखपी; रीत-रविशेचो; सभ्य; माणसुकेचो; • **courtesy (n)** मान-भोंवमान; सभ्यताय; आदर; रीत-रवीस; बरेपण.

courtship (n) (लग्नाच्या हेतान) केल्लो मोग; आराधना.

cousin (n) बापोलभाव , आतेभाव, मामेभाव, मावशेभाव, तशीच भयणीय बी. हांतली कोणूय एक व्यक्ती.

cove (n) ल्हान खाडी.

covenant (n) कबलात; करार; कंत्राट; सोल्ल; दिल्लें उतर.

cover (n) धांपणें; धांकणें; आवरण; आच्छादन; पांगरूण; आलाशिरो; पडडो; लिपचेली सुवात; □ (घो) कवर; लाखाटो; काप; • **(v)** धांपप; व्यापप; न्हेसोवप; (खर्चापुरतो) आसप; □ कार्यावळीक हाजीर रावन पेपराखातीर रिपोर्ट करप; • **coverage (n)** कार्यावळीचो पत्राचेर दिल्लो रिपोर्ट; □ बालांडलेली वाट; घरान बी आडायल्ली सुवात; • **covering (n)** वेश्टण; धांपणें; • **cover-up (v)** धांपप; आसपाव करप; फाटीं घालप; • **(n)** गुन्यावार घाल्ले धांपणें; धांपणें घालपाचो यत्न.

covert (adj) लिपयल्लो; गुपीत; • **(n)** आलाशिरो (ल्हान सावदांचो).

covet (v) (दुसऱ्याचे आस्पतीची) आशा करप; आंवडेवप; • **covetous (adj)** आशेभगत; वसवसो; सोस आशिल्लो; हपापो; □ दुसऱ्याचे वस्तूची आशा करपी; पेल्याची आस्पत हातासपी.

covey (n) झुंड; टोळी; भिरें.

cow (n) गाय; गोरूं; • **(v)** भियेवप; भेश्टावप; गळसणप; गळसणावप; • **young cow (n)** गायरूं; वासरूं; पाडूक; • **cowdung (n)** शेण; • **cowherd (n)** गोरवाराखणो; • **cowpox (n)** गायेच्या पान्यांक येवपी फोड; (ह्या फोडातल्या विशाणूपासून देवीची लस करतात).

coward (adj) भिजूड; कामळीफुज्यांव; हुलके काळजाचो; भेंक्रो; • **cowardice (n)** भिजूडपण; भेजुडाय; भेंक्रेपण.

cower (v) भयान गळसणून वचप; लजेन मान खाला घालप.

cowitch (n) खातकुतली.

coworker (n) सागाती कामगार; बांगडा वावुरपी.

cowpea (n) हळसांदो; चवळी.

coxcomb (n) घमेंडी; फकयो सांगपी मनीस; फुलगो मनीस.

coy (adj) नखरे करपी; लजिल्ल्याचो आव हाडपी.

cozen (v) नाडप; अफरातफर करप; टिका करून पाड घालप.

crab (n) कुल्ली.

crabbed, crabby (adj) तिडपी; □ (अक्षर) गिचमीड; कुल्ले-दोंके कशे; • **crab's eye (n)** गुंज.

crack (n) चीर; वेर; □ फुटिल्ल्याचो आवाज; □ (घो) कॅरॅक; पिसाय; चक्रम; • **(v)** फुटाळ येवप; वेर वचप.

cracker (n) फोगेट.

crackle (v) तडतड आवाज जावप.

cracknel (n) एक कुरकुरीत नकसूद बिस्कूट.

cradle (n) पायणें; □ कित्याचोय आरंभ जाला असो मूळ प्रदेश; • **(v)** पायण्यांत घालप; धोलोवप; अळंग धरप; जतनायेन ल्हानाचो व्हड करप.

craft (n) कारागिरी; हाती काम; □ तंत्र; फिशालकाय; □ होडें; बोट; विमान बी; • **craftsman (n)** फिशाल कारागीर; हातांनी सुंदर-सुंदर वस्तू करपी कारागीर; • **crafty (adj)** चलाख; हिकमती; कारस्थानी.

crag (n) सुळको; तेमूक; देगण.

cram (v) उप्पट भरप; चोंदप; □ परिक्षेखातीर घोकमूपट्टी करप; • **crammer (n)** घोकपी; □ परिक्षेक झटपट तयार करपी; तकलेंत चोंदपी (शिकोवपी).

cramp (n) कळ; वाय; पेटको; □ चिऱ्यांची बांदावळ; □ लोखणाची पट्टी; • **(v)** पट्टेन आंवळप; • **cramped (adj)** सामको आंखूड; □ आंवुळ्ळेलो; □ मुयो कशीं बारीक (अक्षरां).

crane (n) बळार; बकें; □ (घो) क्रेन; जड वस्त उबारपाचें यंत्र; यारी; • **(v)** गळो लांब करून पळोवप.

cranium (n) मेंदवाचें कट्टें.

crank (n) वारीस; आसाचो दांडो; □ कोल्ली; विक्षिप्त मनीस.

crape (n) एक काळें लुगट (दुखाच्या दिसांनी कांय लोक हाचें वस्त्र न्हेसतात).

craps (n) पाशांचो एक खेळ.

crapulent (adj) बेबदीकायेची (दशा).

crash (n) मोट्यान पडिल्ल्याचो, आपटल्ल्याचो आवाज; (विमान) कोसळणी; □ (धंद्यांत) मार; दिवाळें; • **(adj)** बेगीन फायदो दिवपी.

crass (adj) अक्कलशून्य; म्हामूर्ख.

crate (n) (मदीं जागो सोडून मारिल्ल्या) फळयांची वा प्लास्टीकची कास; • **(v)** काशींत घालप वा भरप.

crater (n) ज्वालामुखीचें तोंड; (बॉम पडून जाल्लो बी) वाटकुळसार फोंड.

cravat (n) (घो) ग्रावात; टाय.

crave (v) याचना करप; गळवज्ञा येवन मागप; लालेवप; आशेवप; • **craven (adj)** दीन; काकूटवाणो; बळ नाशिल्लो; • **craving (n)** अत्रेक; उमळशीक; आशेक लागून जाल्ले तळमळे; जिवाची हुमकळणी.

craw (n) जनावराचे वा शेवण्याचे सकनळयेंतली पोती; जनावराचो कोठो.

crawl (v) दिमखुरयां चलप; ओणोव घेवन चलप; पोटयां वचप; सवकास चलप.

crayon (n) (मेणाचो बी) रंगीत खडू वा लाप्स.

craze (n) फॅशन; चॅट; खूळ; नाद; पिशें; • **(v)** नाद लावप; पिसो करप; • **crazy (adj)** खुळो; नादयो; पिसो.

cream (n) मलय; साय; अर्क; सत्व; कित्याचोय बरो वांटो; □ हळडुवसार रंग.

crease (n) घडी; दोड; मिरी; मोड; • **(v)** घडयो घालप; मिरयो घालप; पडप.

create (v) घडोवप; तयार करप; निर्मप; रचप; सर्जन करप; • **creation (n)** मनशान निर्मिल्ल्यो वस्तू; सर्जन; • **the Creation (n)** देवान निर्मिल्लो संवसार; सैम; • **the Creator (n)** ईश्वर; देव; रचणार.

creature (n) जल्माक आयिल्लो प्राणी; किडो, जनावर बी कसलोय जीव; □ व्यक्ती; □ दास; आश्रित.

creche (n) बालवाडी; बालांगण; दिसाच्या वेळार भुरग्यांक सांबाळपाची सुवात.

credene (n) पातयेणी; भरवंसो; भावार्थ; म्हत्व; विस्वास; मोल; • **credentials**

(n) विस्वासू म्हण गवाय दिवपी पत्र; वळख-पत्र; शिफारस-पत्र.

credibility (n) पत; प्रतिश्ठा; • **credible** (adj) पतीचो; प्रतिश्ठेचो; विस्वास दवरूं येत असो; प्रामाणिक.

credit (n) श्रय; पत; पातयेणी; भरवंमो; भावार्थ; □ उदारी; □ जमा आशिल्लो दुडू; अर्थीक बळ; □ प्रशस्ती; • (v) विस्वासप; जमा करप; • **creditable** (adj) कौतूक करीसारको; मान-भोवमान हाडटा तसलो; • **creditor** (n) गेण दिवपी; जाका देगें आसा तो; सावकार.

credulity (n) कानपोकळेपण; कित्याचेरूय भावार्थ दवरपाची वृत्ती; सादेपण; भोळेपण; अरवळपण.

creed (n) संप्रदाय; पंथ.

creek (n) लहान खाडी; नद्येचो भुयेंत रीग.

creep (v) सामकी बाग घेवन भुयेंक तेकून वचप; पांय वाजयनामतना चलप; वाल्लीचें भुयेर पातळप वा वयर चडप; भयान वा वींट येवन शिरशिरप; • **creeper** (n) वाल; वेल; सरपटत वचपी वा वयर चडपी वाल.

cremate (v) लासप; जाळप; (प्रेताक) अग्नी दिवप; • **crematorium** (n) स्मशान; मसंड.

crepe (n) खरखरीत लुगटाची एक जात; बुटाचो खरखरीत रबरी तळ.

crepitate (v) कडकड आवाज करप.

crescendo (n) वाडटी गती (उदरगतीची; आवाजाची).

crescent (n) वाडटो चंद्रकळा; • (adj) चंद्रकळेभाशेन वाडटो.

crest (n) (कोंब्याचें बी) शेकरें; दोंगुल्लेचें, लहाराचें बी तेमूक; तेंगशी; • (v) ऊंचाय गांठप; तेमकार पावप (जैताच्या बी).

crevice (n) चीर; फूट; भेगो; वेर; □ घळ; पोखर.

crew (n) विमान वा बोर्टीतलो कर्मचारी वर्ग; एकठांय वावुरतल्यांचो पंगड.

crib (n) गवण; गोठ्यांतली खावड दवरपाची सुवात; □ भुरग्याची कांठाची बाज्ज; □ जेजूच्या जल्माचो देखाव.

crick (n) फाटीचो वा मानेचो कसकस; कळ.

cricket (n) क्रिकेट खेळ; □ गतकिडो; तोळ.

crier (n) रडपी भुरगें; भुरग्याभाशेन रडपी मनीस; □ पेरगांव घालपी; आड्डून सांगपाचें काम करपी.

crime (n) (घो) क्रीम; मोटो गुन्यांव; अपराध; • **criminal** (adj) गुन्यावामंबंदीत; गुन्यावगारी; गुन्यावाचो; • (n) गुन्यावगार; क्रिमीदार; • **criminal investigation** (n) गुन्यावाचो सोद घेवप.

crimp (v) मिरयो घालप; घडयो करप; □ केंस कोंगरे करप.

crimson (adj) किरमिजी (रंग); गुलाली (रंग); • (v) लजप; लजिल्ल्यान तांबडे जावप (पोले).

cringe (v) भयान फाटीं सरप; हातापांया पडप; लेंगलेंग करप; लाचार जावप.

crinkle (v) मिरी पडप; शिरकुटी पडप; • (n) मिरी; दोड; शिरकुटी.

cripple (n) अपंगूळ मनीस; अचकूल; पांगळो; धोंटो; • (v) पांगळो करप; शक्त मोडून घालप; □ बरगेवप; • **crippled** (adj) अपंगूळ; अचकूल.

crisis (n) पेंचप्रसंग; संकश्टाची घडी; □ निर्णयाची घडी.

crisp (adj) कुरकुरीत; विरविरीत; □ नेटको; टक्क; • (n) बटाटाचें, कणंगाचें

मान (वेफर); • (v) कुरकुरीत करप.

criss-cross (adj) आडवो-तिडवो; वांकडो-तिकडो.

criterion (n) कस; कसवटणी; तर्जणी; निकश.

critic (n) टिकाकार; परिक्षक; समिक्षक; □ कुच्छित्री मनीस; दुसऱ्याक तासपी; तेरे धरपी.

critical (adj) कठीण; बारिकसाणेचो; निर्णायक; गंभीर.

criticism (n) टिका; परिक्षण; समिक्षण; □ टिकात्मक लेख; शेरो; • **criticize** (v) बारिकसाणेन चर्चा करप; टिका करप; दुसऱ्याक तासप; दुसऱ्याची व्हाइडीक करप.

croak (n) बेब्यांचें, मांडक्यांचें वा कावळ्यांचें क्रा क्रा करून रडणें; • (v) पिरंगत रावप.

crochet (n) सुताचें विणकाम.

crock (n) मातयेचें आयदन; कयली; □ कावलाक आयिल्ली वस्त; प्राण नाशिल्लो मनीस वा जनावर.

crockery (n) (घो) क्रॉकरी; चिनी मातयेच्यो चिक्करियो बी.

crocodile (n) मानगें; • **crocodile tears** (n) अडेचीं दुकां; • **shed crocodile tears** दुख्ख जाल्ल्याचें सवंग करप.

crone (n) जर्जर जाल्ली म्हातारी.

crony (n) दाट इश्ट.

crook (n) कोंक आशिल्ली बडी; केल्याची बडी; □ वांकडे चालीचो, कारस्थानी मनीस; • **crooked** (adj) नीट, सरळ वा समतळ न्हय असो; अबडदबड; □ अप्रामाणिक; सरळ न्हय अशी (व्यक्ती); कारस्थानी.

croon (v) आपलेभितर गावप; गुणगुणप.

crop (n) धान्याचें पीक; वरवाची फसल; □ शेवण्याचे सकनळयेची पोती; □ लुवणी; □ (केंसांची) कापणी; • (v) लुवप; बीं रुजप; □गोरवांचें चरप.

cropper (n) पीक दिवपी वनस्पत; • **come a cropper** (v) नेटान आदळप; घो करून पडप; सामको आपटप; □ अपेशी थारप.

crore (n) एक कोट (संख्या); शंबर लाख.

cross (n) खुरीस; + अशी कुरू; फुली; x अशी कुरू; □ तिस्क; चवाटो; • (v) बालांडप; हुपप; □ पलतडी वचप; □ (चेक) क्रॉस करप; □ विरोध करप; • (adj) तिरसुवाद; आडवो; आड; • **crossbar** (n) आडबारें; आडामो; कोयंडो; • **cross-examine** (v) न्यायालयांत उरफाटी तपासणी करप; रुजवात करप; • **crossing** (n) (घो) क्रॉसींग; मोटारी बी रेल्वे रूळ बालांडटात तें मेर; □ पलतडी वचपाची सुवात; □ तिस्क; चवाटो; • **crossword** (n) शब्दाळें; उतरां-कुवाडें.

crotch (n) केलकें; बेळें; □ कपडे हुमकळावपाचो आंकडो.

crotchety (adj) कोल्ली; झगडाळ; तापट; झोड.

crouch (v) उकडयां बसप; (माजराभाशेन) उडी घालपाचे आयटीन बसप.

crow (n) कावळो; • (v) काव-काव करप; कोंकारप.

crowbar (n) काटाणी; जड सामान हालोवपाची पारय; लवंग.

crowd (n) गर्दी; खेट; दाटी; उरपंज; भुरावळ.

crown (n) मुकूट; □ तेमूक; □ एक ब्रिटीश नाणें; • (v) राज्याभिशेक करप.

crucial (adj) चड म्हत्वाचो; निर्णायक.

crucible (n) धातू वितळावपाचें आयदन.

crucifix (n) जेजू क्रिस्ताची मुर्ती आशिल्लो खुरीस; • **crucify** (v) खुरसार खिळावन जिवानशीं मारप; वळवळावप; हालहाल करप.

crude (adj) अर्बट; रानवट; रुक्ष; असंस्कृत; □ अर्दकुटो; तरणो; धोडो.

cruel (adj) दया-माया नाशिल्लो; क्रूर; निश्ठूर; पोडूर; • **cruelty** (n) क्रूरताय; निखड्डाय.

cruet (n) शिसली; मीठ, मिरयां-पिठ्याच्यो मेजावयल्यो शिसल्यो.

cruise (v) उदकांतली भोंवडी; न्हंयत, दर्यांत सफर, पासय; • **cruiser** (n) (घो) क्रूझर; वेगान वचपी झुजा-बोट.

crumb (n) (पावाचो बी) कुडको; पावाभितल्लो गरोप; □ कण.

crumble (v) कोसळून पडप; पडून कुडके-कुडके जावप; पिठो जावप; □ मोडून वचप; नश्ट जावप.

crummy (adj) हळशिकावणो; उणाक; उपकरनाशिल्लो.

crumple (v) चिरंगुटप.

crunch (v) कुरुकुरु चाबप; चाबतना कुरुकुरु आवाज जावप.

crusade (n) धर्मयुद्ध; वायट चालींआड चळवळ; नेटाचें आंदोलन.

crush (v) चिड्डप; चेपप; पिळप; पूड करप; • (n) फळांचो रोस.

crust (n) खवळो; कट्टें; पावाचो वयलो दाट थर.

crutch (n) थोंट्याची कुबडी, तेंको; पांगुळघोडो; • (v) आधार दिवप; तेको घेवप, दिवप.

crux (n) मर्म; गोम; मूळ प्रस्न; म्हत्वाचो मुद्दो; कठीण विशय.

cry (v) रडप; हुडकेवप; आड्डप; विकळापप; आधाराक उलो मारप; किळाची मारून लक्ष ओडप; • (n) रड; □ उलो; □ आड्डणी; • **cry-baby** (n) रडवो; रडूबाय; • **crying** (adj) सोंसपापेली, ताकतिकेची (गरज); जाचे आड रोखड्यारोखड्यो उपाय घेवंक जाय असो (अन्याय).

cryptic (adj) गूढ; रहस्यान भरिल्लो; गुटान रेवडायल्लो.

crystal (n) फटीक; सूर्यकांत; एक लकलकीत खडो; जांतल्यान आरपार दिसता असो एक धातू.

cub (n) शींव, आंस्वेल आदींचो पेटो; □ रीत-खोंस नाशिल्लो तरणाटो; हूड.

cube (n) घन; घनाकार वस्त; एका सारक्या स कुशींची वस्त; • **cubic** (adj) घनाकार; लांबाय, रुंदाय आनी उंचाय आशिल्ली (वस्त).

cuckoo (n) कोगूळ.

cucumber (n) पिपरी; तवशें.

cud (v) रवथ करप; तोंडांत घोळोवप; □ चिंतन, मनन करप.

cuddle (v) वेंगेंत घेवप; गोपांत घेवप; मायेन म्हऱ्यांत घेवप; सांसपप; म्हऱ्यांत घेवन अपुर्बाय करप.

cudgel (n) तोंडको; दांडो.

cue (n) कुरू; संकेत; इशारो; सुचोवणी; □ बिलियर्ड खेळांतली दांडी.

cuff (n) (घो) कफ; खमसाचो मनगटाकडलो भाग; • (v) थापट मारप; • **cuffs** (n) हात-बेडयो.

cuisine (n) रांदची कूड; जेवण-खाण; जेवणाचे जिनस.

culinary (adj) जेवणाखाणाचो; जेवणाखाणाविशीं.

cull (v) खुडप; वेंचून काडप (फुलां); □ हिंडांतलीं अदिकतराचीं जनावरां मारप.

culminate (v) ऊंचांत ऊंच सुवातेर,

निमाण्या पोंतार पावप.

culpable (adj) गुन्याव शाबीत जाला असो; ख्यास्तीक पात्र.

culprit (n) अपराधी; गुन्यावगार; वायट करणी करपी.

cult (n) संप्रदाय; पंथ; मार्ग.

cultivate (v) भूंय कसप; रोवप; पीक काडप; कमाशी करप; □ आंगांत गूण केळोवप; इश्टागत वाडोवप.

cultural (adj) सांस्कृतिक; संस्कृतीक; संस्कृतायेसंबंदीत; • **culture (n)** संस्कृताय; सभ्यताय; बरी देख; □ उपजण.

culvert (n) साकव; (रस्त्याचो) कान.

cumber (v) आडमेळें हाडप; गरजेभायर मोडटो घालप; • **cumbersome (adj)** किचकनडीचें; कश्टांचें.

cum(m)in (n) जिरें.

cumulative (adj) भर पडिल्ल्यान वाडत वचपी (दुड्डु); संचयी.

cunning (adj) नाडबुद्दी; धूर्त; तिरसुवाद.

cup (n) कप; चिक्र; च्यावन; पेलो; □ (खेळांतल्या बी) जैतवंताक दितात तो करंड.

cupboard (n) आरमार; कपाट; □ कत्रेल.

cupidity (n) (धनाची) खर वानसा; सोक; आस.

cupola (n) कळस; घुमट.

curable (adj) निवळपासारको; पेखपासारको; गूण पडटलो असो; • **curative (n)** निवळण; पिडेचेर उपाय; वखद.

curate (n) पाद्रीचो पालवी.

curb (n) नियंत्रण; लगाम; आवरणें; • **(v)** शेकाखाला दवरप; लगाम घालप; नियंत्रणांत दवरप.

curds (n) धंय; • **curdle (v)** धंय करप; मुळेणांत घालप; विरजण घालप.

cure (n) उपचार; उपाय; वखद; निवळण; • **(v)** बलायकी बरी करप; रोग ना करप; उपचार करप; सारको करप.

curfew (n) (घो) कर्फ्यू; संचारबंदी; लोकांक घराभायर सरूंक मनाय केल्लें फर्मान; रस्त्यार येवंक बंदी.

curio (n) अपरूप वस्तू.

curious (adj) बारिकसाण घेवपी; जिज्ञासू; चवकस; □ विलक्षण; • **curiosity (n)** बारकाय; बारिकसाण; जिज्ञासा; □ नवल.

curl (v) (केंस) मुदयाळे करप; कोंगरे करप; □ बागोवप; • **(n)** (केंसांची) मुदी; वाटकूळ.

currant (n) पास; खिसमीस.

currency (n) दुडवांचें चलन; दुडू.

current (n) झोत (उदकाचो, विजेचो बी); • **(adj)** चालंत; तुर्ताचो; वर्तमानकाळांतलो.

curriculum (n) अभ्यासक्रम; शिकपाचें वेळापत्रक.

curry (n) (घो) कडी; हुमण; कालवणें; आम; रोस.

curse (n) स्राप; शिराप; खेपणी; □ रागणें; मालदिसांव; □ संकश्ट; • **(v)** खेपप; स्रापप; सवप.

cursive (adj) (बरप) तोडिनासतना बरयल्लें; एकामेकाक लागिल्लें; □ सडसडीत, तुरतुरीत चलपी; • **cursory (adj)** उडटी, धांवती (नदर); वयलेवयर पळयल्लो; उखलापो.

curt (adj) तुटको.

curtail (v) उणो करप; (कातरून) ल्हान करप.

curtain (n) पड्डो; • **(v)** पड्डो सोडप;

पड़ल्यान धांपप.

curvature (n) बाग; वांक; मोडण.

curve (n) बाग; मोडण; • **(v)** बागोवप; बाग घेवप.

cushion (n) उशें; लोड; मोव बसका; गिर्दन; • **cushion on head (n)** चुमळ.

custard (n) (घो) कस्टर्ड; दूद, तांतीं आनी साखर हांचें गोड्सें.

custard apple (n) शिताफळ; आंतेर.

custodian (n) सांबाळपी; राखणदार; पालक; • **custody (n)** ताबो; राखण; सांबाळ; □ बंदखण.

custom (n) चाल; दस्तूर; प्रथा; रीत; रिवाज; वयवाट; बाब.

customer (n) गिरायक; विकतें घेवपी; खरेदी करपी.

customs (n) मानडवी; जकात; आयात-कर; • **customs-house (n)** जकात-कचेरी.

cut (n) घाय; कातरो; कारवण; फाड; • **(v)** कातरप; चिरप; कुडके करप; □ न्हान करप.

cute (n) (चली वा बायल) गोमटी; सुंदर आनी हुशार.

cuticle (n) नाखटार्पोदची कात.

cutlery (n) कातरी, सुरयो, कुलेरां, पिसकात्यो बी सायित्य.

cutlet (n) (घो) कटलेट; दांगर.

cutter (n) दर्जी; शिंपी; □ कातरपाचें यंत्र; • **cutter & scrapper (on wooden plank) (n)** आदोळी; • **cutting (n)** कातरण (मार्गाचें); कातरण (पेपराचें).

cycle (n) चक्र; □ सायकल (वाहन); • **(v)** सायकल चलोवप; • **cyclist (n)** सायकल चलोवपी.

cyclone (n) तुफान; मोड; आकांताचो वाव; चक्री वादळ.

cyclopaedia (n) ज्ञानकोश; गिन्यानभांडार.

cyclostyle (v) (घो) सायक्लोस्टायल करप; □ यंत्रांतल्यान स्टेंन्सीलच्या आधारान प्रती काढप.

cygnet (n) हांयसाचें पील.

cylinder (n) (घो) सिलिंडर (गॅसाचें; ईंजिनाचें); आडकुळें; दंडगोल; लांबवाटकूळ.

cymbal (n) झांज, कासाळें, टाळ (हांचे जोडयेंतलें एक).

cynic (n) मनीसघाणो; तिरसट; तुसडो; सगलें वांकडें पळोवपी; वांकडें उलोवपी; उपेक्षावादी.

cynosure (n) आकर्शण केंद्र; आदर दिसपाचें केंद्र; सगळेच पळयतात अशी व्यक्ती वा वस्त.

cypher (n) पळयात **cipher.**

cyst (n) आंगांत जावपी गूठ वा गांठ; पुळी; फोड.

D d

D d रोमी अक्षरमाळेचें चौथें अक्षर.

dab (v) अळंग चिटप; अचळय ल्हवू थापटप; • **(n)** अळंग स्पर्श; थापटणी.

dabble (v) उदकांत हातपांय मारप; खवदळप; बुचकळप; □ बोवाळप; अर्दकुर्टें वयलेवयर काम करप.

dacoit (n) डाकू; लुटमारो; घरफोडो; • **dacoity (n)** दरवडो; लुटमार; घरफोडी.

dad, daddy (n) भुरग्यान बापायक उलो मारचेलें संबोधन; बाबा; पापा; पाय.

daffodil (n) एक हळडुवें फूल; • **(adj)** लेव हळडुवो.

daft (adj) पिसो; आवटो; कोल्ली.

dagger (n) सुरो; पिसकाती; □ कट्यार; खंजीर; बिचवो.

dahlia (n) एक फूल; दाल; ह्या फुलाचें झाड.

daily (adj) दिसपट्टो; • **(adv)** दिसानदीस; सदां; नित्याक; • **(n)** दिसाळें; दैनिक; • **daily wages (n)** रोजी; दिसवडो.

dainty (adj) रुचीक; सुवादीक; □ नाजूक; टक्क; ठाकठीक; • **(n)** मौजेची खबर; फकाण.

dairy (n) (घो) डेरी; दूद आनी दुदाचे जिनस विकपाची सुवात; • **dairy farm (n)** दुदाचीं गोरवां पोसपाची आनी दूद काडपाची सुवात.

dais (n) माची; व्यासपीठ; वेदी.

dally (v) मौजमजा करप; रंगयाळपणांत रमप; □ कळाव करप; वेळ वगडावप; • **dalliance (n)** मौजमजा; रंगयाळपण; □ कळाव; वेळाचो इबाड; कामाकडेन दुर्लक्ष.

dam (n) व्हड बांद; धरण; • **(v)** बांद घालप; धरण बांदप.

damage (v) मोडप; इबाडप; लुसकान करप; नाशें करप; • **(n)** इबाड; लुसकान; नाशें; • **damages (n)** लुसकानाचें फारीकपण.

damask (n) उबार चित्रांचें एक रसमी वा सुती लुगट.

dame (n) अस्तुरी; बायलमनशेचें भोवमानाचें संबोधन.

damn (v) खेपप; शिरापप; सासणाक ख्यास्तीक लावप; • **damnable (adj)** तिरस्कार दिससारको; जाका पळयनाफुडें तकली विरार जाता असो.

damp (adj) ओलसार; शेळीचो; दमट; • **(v)** भिजोवप; खचोवप; उमेद देंवोवप; त्राण काडप; • **dampness (n)** ओल; शेळ.

damsel (n) वयावयली चली; तरुणी;

युवती; तरणाटी.

dance (n) (घो) दांस; डॅन्स; □ नृत्य; नाच; नाचाची कार्यावळ; • (v) नाचप; तालार नृत्य करप; • **dance drama** (n) नृत्यनाट्य.

dandle (v) भुरग्याक धोंपरांचेर वा हातांनी झेलोवप.

dandruff (n) मांथ्याक पडिल्ली खरड.

dandy (n) चड नटपी मनीस; झकपक न्हेसून भोंवपी; फुलगो.

danger (n) संकश्ट; विघ्न; घात; वायट प्रसंग; पेरीग; • **dangerous** (adj) संकश्टाचो; घातमारो; भयाकृत; पाडो.

dangle (v) सदळसाणेन हुमकळप; लांबप; लांबोवप आनी झेलोवप; हांयस दाखोवप; हांयसाचे दिशेन वचप.

dank (adj) सोसू नज इतलें शेळे; थंड किरांव.

dapper (adj) न्हेसपात टक्क; सोबीत.

dare (v) काळीज करप; काळीज दाखोवप; धाडस करप; अंदाजा करप; • **daredevil** (n) काळ; • (adj) संकश्टाक भियेना असो; • **daring** (adj) धाडशी; कपशेचो; धीरवंत; • (n) कपशी; धाडस; अंदाजा.

dark (adj) काळो; काळखो, • कश्टी; उदास; त्राशीक; □ (रंग) गाड; • (n) काळोख; अन्नाडीपण; • **darken** (v) आंदरप; काळोख जावप; • **darkness** (n) काळोख; अज्ञान.

darling (n) जीवनकळेची व्यक्ती; काळजाचो गोंडो; चड मोगाची प्रिय अशी व्यक्ती; अपुर्वायेचो; लाडको (भुरगो).

darn (v) रफू करप.

dart (n) भालो; तीर; • (v) नेटान धांवप; नेटान मोखप; सोडप.

dash (v) आपटप; धपटप; □ मोडप; कुडके जावप; □ ताकतिकेन वचप; धांव मारप; • (n) अचकीत घाल्ली धुरी; • बरपांतली आडवी काडी; – अशी कुरू; • **dashing** (adj) संकश्टाची पर्वा करिनाशिल्लो; संकश्टांत उडी मारपी; फुडें सरपी; धडक दिवपी.

data (n) (घो) डाटा; मुळावी म्हायती; आधार सामुग्री.

date (n) तारीख; तीथ; दीस; □ मेळपासंबंदान थारावणी; □ खाजूर; • (v) तारीख दिवप; मेळपाचो दीस थारावप; • **date palm** (n) खाजूर; खारीक.

daub (v) (वणटीर बी) कित्याकितेंय बरोवप; खतावप.

daughter (n) धूव; आवयबापायची चली; चेडू; • **daughter-in-law** (n) सून.

daunt (v) भेश्टावप; दरकारांत दवरप; कांचांत दवरप.

dawdle (v) सवकास चलप; दिर्गा लावप; कांय करिनासतना उबो रावप; गणावप.

dawn (n) फातें; फांतोड; जेजुट्टें; उजवाडटें; जिळमिळटें; तांबशीर; • (v) समजिकाय मेळप; उजवाड पडप; उजवाड जावप; काळोख ना जावप (मनांतलोय बी).

day (n) दीस; रात सोडून उरिल्लो दिसाचो काळ; □ चोवीस वरां; • **half day** (n) मायतो; आदेस.

daze (v) धक्को दिवन गोंदळावप; धटकावप; चकासूर करप.

dazzle (v) दिपकावप; अजापांत घालप.

dead (adj) मेल्लो; जीव नाशिल्लो; निर्जीव; • (adv) पुराय; पुरतो.

deaf (adj) भेरो; भेड्डो; भयरो.

deal (v) वेव्हार करप; संबंद दवरप; वयवाट दवरप; मांडणी करप; व्यापार धंदो करप; (धपको) मारप; • (n) व्यापारी

कबलात; सोल्ल; • **dealer (n)** व्यापारी; वेव्हार करपी; • **dealings (n)** वेव्हार; वयवाट; संबंद.

dean (n) (घो) डीन; विद्यापिठाच्या विभागाचो मुखेली; □ इगर्जेचो एक अधिकारी.

dear (adj) मोगाचो; प्रितिचो; प्रिय; अपुर्बायेचो; □ मानेस्त; मानादीक; □ मोलादीक; म्हारग; उंची; • **dearness allowance (n)** म्हारगाय भत्तो.

dearth (n) उणाव; तूट; दुकळ.

death (n) मरण; मृत्यू; जिविताचो शेवट; अंत.

debacle (n) (सैन्यान) अचकीत खाल्लो मार; पुराय पराजय; दानाधिसपट; अपेस.

debar (v) (भितर सरूंक) बंदी घालप; प्रवेसाक मनाय करप; भायरावप; कडाळप; वर्जप.

debase (v) हिणसावप; किरकोळावप; उणाक थारावप; कुसकुटावप.

debate (n) (घो) डिबेट; एकादऱ्या विशयाचेर लोकांमुखार केल्ली आरती-परती चर्चा; भासाभास; • **(v)** चर्चा करप; भासाभास करप.

debauch (v) नीत सोडून जियेवप; व्यभिचार करप; विकृत वागप; शिंदळकी करप.

debenture (n) (घो) डिबँच्यर; सरकारान वा व्यापारी कंपनीन दिल्लें रीण-पत्र.

debilitate (v) जिवान भागप; खिन्नटप; अनारोग्यान रसणाय वगडावन बसप.

debit (v) पयशे (देणें) म्हणून नांवार बरोवप; खर्चाक घालप.

debonair (adj) बरे चलणुकेचो; टक्क; आनंदी; खुशाल; प्रसन्न चित्त.

debris (n) कोयरा-रास; वास्तू कोसळ्ळे-उपरांत जाता ती रास; कचप.

debt (n) रीण; देणें; देवें; कर्ज; • **debtor (n)** रिणकारी; देणेंकारी.

debut (n) माचयेर पयले फावट प्रवेस; कलाकाराची माचयेवयली पयली कार्यावळ; मैदानार गड्याचो पयलो खेळ.

decade (n) दसक; धा वर्सां.

decadence (n) (राष्ट्राचो व्हडविकेक पावले उपरांतचो) पडटो काळ; देंवती कळा; अवकळा; • **decadent (adj)** देंवते कळेचो; □ दशाहीन; □ धरबंद सोडिल्ली (व्यक्ती).

decagon (n) दसकोन.

decalogue (n) देवाच्यो बायबलांतल्यो धा आज्ञा; आज्ञादसक.

decametre (n) धा मीटर जोख.

decamp (v) तळ सोडून वचप; (पयशे चोरून) जाग्यावयलो पळून वचप.

decant (v) निसतावप; एका आयदनांतल्यान दुसऱ्या आयदनांत अळंग ओतोवप.

decapitate (v) गोमटी उडोवप; तकली मारप.

decay (v) इबाडप; गळप; पाड जावप; वाट लागप; कुसप; • **(n)** इबाड; पाड.

decease (v) मरप; अंत जावप; • **(n)** मरण; मृत्यू; सर्गवास; • **deceased (adj)** सर्गवासी; • **the deceased (n)** हालींच भायर पडिल्ली व्यक्ती.

deceit (n) तड्डक; घात; कंवटाळ; • **deceive (v)** तड्डक करप; घात मारप; नाडप; फटोवप.

December (n) डिसेंबर; क्रिस्ती वर्साचो बारावो म्हयनो.

decency (n) सभ्यताय; माणसुकी; • **decent (adj)** सभ्य; रिती-रविशेचो.

decennial (adj) दर धा वर्सांनी येवपी.

decentralise (v) विकेंद्रीकरण करप; ठांयठांय विखरप.

deception (n) विस्वासघात; फटवण.

decide (v) थारावप; □ नीत करप; □ निकाल दिवप; • **decision (n)** थारावणी; निर्णय; संकल्प; □ निवाडो; • **decisive (adj)** निर्णायक; थीर.

decimal (adj) दशांशाचो; दशमान (पद्धत).

decipher (v) गूढ वा अनवळखी बरपाची फोडणिशी करप; अर्थ लावप; समजाविशी घेवप.

deck (n) (घो) डॅक; बोटीची वा बसीची माळी; • **(v)** धांपणें घालप; सजोवप; नेटोवप.

declaim (v) काळजांतसावन उलोवप; परिणाम जायसारकें भाश्य करप; □ हिणसप; □ जाहीर निशेध करप.

declaration (n) भौशीक कळोवणी; दाखलो; जाहीर सांगणी; घोशणा; **declare (v)** जाहीर करप; परगटावप; सगल्यांक कळसारकें सांगप; गमोवप.

decline (v) नाका म्हणप; न्हयकार दिवप; वर्जप; □ बागोवप; लकप; वांकप; • **(n)** देंवती कळा; पडटी अवस्था; अवकळा; नाश.

declivity (n) देंवणी; देंवती; पालसण; घसारी.

decoction (n) कसाय; काडो; अगळ; सार.

decode (v) गूढ बरपाची फोडणिशी करप; समजाविशी घेवप.

decompose (v) कुसप; इबाडप; पाड जावप; □ विसकळप; विसकळावप.

decontaminate (v) जंतूविरयत करप; निर्मळ करप.

decontrol (v) नियंत्रण काडप; मेकळें करप.

decorate (v) सजोवप; सोबीत करप; □ भोवमान करप; (बिरूद बी दिवन) सन्मानप; • **decoration (n)** सजावट; कंगरखीस; आरास.

decorous (adj) (उलोवपांत, वागपांत, न्हेसपांत बी) रितीचो; मानमयदिचो.

decoy (v) (लागीं ओडुंक) हांयस दाखोवप; लाग करप; भुलोवप; फुसलावप.

decrease (v) ल्हान वा उणो करप; देंवोवप; उणावप; • **(n)** उणाव; तूट.

decree (n) (घो) डिक्री; शासनपत्र; सरकारी फर्मान; हुकूमनामो; □ न्यायालयाची फर्मावणी.

decrepit (adj) जर्जर जाल्लो; बरगेल्लो; कोसमेल्लो; □ अपंगूळ; अचकूल.

decry (v) वायट उलोवप; उणाक लेखप; कुसकुटावप; निंदा करप; हिणसावप.

dedicate (v) ऑपप; अर्पण करप; बऱ्या वावराक माथें मारप; □ पुस्तक बी अर्पण करप.

deduce (v) (वस्तुस्थिती लक्षांत घेवन) तर्जप; अनुमान काडप; तर्क करप; निर्णयार पावप.

deduct (v) उणो करप; वाशील करप; वजा करप; (पगार बी) कातरप.

deed (n) (घो) डीड; (धिटायेची) करणी; कर्तूब; □ बरयल्लो करार; □ मालकी हक्काचो दुकुमेंत.

deem (v) मानप; समजप; चिंतप; येवजप; धरप.

deep (adj) खोल; गाड; चड भितर; • **very deep (adj)** चड खोल; अगड.

deer (n) कुरंग; चितळ; भेंक्रें; मेरू.

deface (v) इबाडप; विद्रूप करप.

de facto (adv) वस्तुस्थितीप्रमाण; आसा ते स्थितीप्रमाण; प्रत्यक्षांत (कायद्याक धरून

घडये नासत); **de facto owner:** प्रत्यक्षांत जाचेकडेन तावो आसा तो.

defalcation (n) (हातासपाखातीर) दुडवांचो घोळ; अफरातफर.

defame (v) (दुसऱ्याचें) नांव इबाडप; अपकीर्त करप; इस्ती-फस्ती करप; बदनामी करप; • **defamation (n)** बदनामी; दुसऱ्याची अपकीर्त.

default (v) लागणुकेक चुकप; देण्याचो हप्तो चुकोवप; गैरहजर रावप; • **(n)** चूक; भूल; अनुपस्थिती; • **defaulter (n)** दोशी; □ हप्तो वेळार भरिनाशिल्लो; □ फौजेंतलो अपराधी शिपाय.

defeat (v) हार घालप; पराभव करप; निर्फळ करप; • **(n)** हार; अपेस; धूळदशा.

defecate (v) निवळ करप; हागप; कोठो साफ करप.

defect (n) दोश; उणेपण; कूत; अपुरेपण; • **(v)** कर्तव्याक चुकप; आपलो पक्ष सोडून दुसऱ्या पक्षाक मेळप; • **defection (n)** पक्षत्याग;• **defective (adj)** इबाडिल्लो; दोश आशिल्लो; लागिल्लो.

defend (v) राखप; राखण करप; सांबाळ करप; वाटावप; तारप; □ कोर्टांत बाजू मांडप; समर्थन करप; • **defence (n)** राखण; रक्षण; □ (कोर्टांत) बचाव; प्रतिवाद.

defer (v) स्थगीत करप; मुखार करूंक दवरप; लांबणेर उडोवप; □ दुसऱ्याची इत्सा मानप; भिडेक पडप; मुरवतीन हय म्हणप; • **deference (n)** भीड; मुर्वत; मान; कंगशा.

defiant (adj) आडांगी; उर्मट; अत्रवीद; आपसुलाद; नेम मोडपी; मस्तो; पडमूर.

deficient (adj) अर्दकुटो; कितें पूण उणें आशिल्लो; उणावाचो; अपुरो; अपूर्ण; तुटीचो; • **deficit (n)** उणाव; तूट; खूट; नुपुरवण.

defile (v) हळशीक करप; म्हेळावप; इबाडप; □ रस्तीन, रांकेन वचप.

define (v) अर्थ स्पश्ट सांगप; शीम-मेर थारावप; व्याख्या थारावप; • **definite (adj)** स्पश्ट; निश्चीत; जथापथ; • **definition (n)** व्याख्या; लक्षण.

deflate (v) (टायरांतलें बी) वारें काडप; रितो करप; मोल देंवोवप; विस्वास वगडावपासारकी परिस्थिती हाडप.

deflect (v) वांकडे वाटेन वचप; सरळ वाट सोडप; थारायल्लो बेत बदलप; वाट बदलप.

deform (v) विद्रूप करप; रूप, आकार बदलप; • **deformity (n)** उणेपण; व्यंग; धोंग-पोंग; विकटाय.

defraud (v) नाडप; फटोवन दुडू फारावप.

defray (v) खर्च सोंसप; □ रीण फारीक करप; भरपाय करप; भरताड करप.

deft (adj) फिशाल; कुशळ; कसबी; निपूण.

defunct (adj) चलनाशिल्लो; पोरणो; सोंपिल्लो; मेल्लो.

defuse (v) (उचांबळीत वातावरण) शांत करप; (विजेचो, बॉमाचो) फ्यूझ काडप.

defy (v) विरोध करप; प्रतिकार करप; अवज्ञा करप; हुकूम मोडप.

degenerate (adj) वायट चालीचो; पारपोळ; दुर्गुणी; कितेंय करपी; शिद्दनिशिद्द नाशिल्लो; • **(v)** वायट मार्गान वचत रावप; अधोगती जावप; इबाडप; • **degeneration (n)** अवकळा; अधोगती.

degrade (v) पांवडो देंवोवप; उणाक थारावप; किरकोळावप; □ खाला देंवप (वर्तनान); दशा वगडावप; • **degradation (n)** अवनती; धूळदशा.

degree (n) (घो) डिग्री; पदवी; अंश;

□ पांवडो; सपण; परिमाण; श्रेणी.

dehydrate (v) कुडींतलें उदक उणें जावप; निर्जलीकरण कारप; □ सुकप.

deify (v) (दुसऱ्याक) देव करप; देव मानप.

deign (v) कृपा करप; □ एकादें काम करूंक योग्य मानप.

deity (n) देव; देवता; □ देवपण; देवाभाशान सभाव; • **the Deity (n)** देव; ईश्वर; परमेश्वर; • **offering to the Deity (n)** काणूक.

dejected (adj) उदास; निर्जेल्लो; पडिल्ल्या मनाचो; विटिल्लो.

de jure (adv) कायद्याप्रमाण; कायद्यान; अधिकारान.

delay (n) कळाव; लांबणी, मेथरावणी; • **(v)** कळाव लावप; लांबणेर उडोवप; मेथरावणी करप.

delegate (n) प्रतिनिधी; पडहात; • **(v)** (अधिकार) दिवप, (सत्ता) दिवप; (कामाची) वाटणी करप; • **delegation (n)** शिश्टमंडळ; प्रतिनिधी-मंडळ.

delete (v) काडून उडोवप; वगळप; कडाळप; बातील करप; • **deletion (n)** कडसरावणी; भायरावणी.

deliberate (adj) जाणा जावन केल्ली (करणी), आगून, आदी थारावन केल्ली; • **(adv)** मुजरत; वळया; जाणा जावन; • **(v)** चिंतप; नियाळप; भासाभास करून निर्णय घेवप.

delicacy (n) नाजूकसाण; नाजूक नकसूद जावेम; □ गोड रुचीक जिनस; • **delicate (adj)** नकसूद; नाजूक; मधूर.

delicious (adj) रुचीक; चमत्कारीत; सुवादीक; भोवच रुचीचो.

delight (v) खोशी करप; प्रसन्न करप; • **(n)** खोस; प्रसन्नताय; आनंद.

delimit (v) शीम घालप; नीस घालप; मेर घालप; वांटे करप.

delineate (v) आंखप; रेखप; नकसो करप; बरोवन वर्णप.

delinquent (adj) अपराधी; गुन्याव करपी; लागणूक सोडपी.

delirious (adj) (जोर माध्याक चडिल्ल्यान वी) बडबडारी; झांकपी; मादन जाल्लो; • **delirium (n)** उन्माद; भ्रम.

deliver (v) (वस्त वा चीट) व्हरून दिवप; सुवादीन करप; □ (बाळकाक) जल्म दिवप; (भाशण) करप; मेकळो करप; • **delivery (n)** पोंच; वांटणी (चिटी, पत्रां, वस्तूची वी); □ बाळंटेर; बायंटर; □ उलोवपाची तरा; □ मेकळीक; सुटका; मुक्ती.

dell (n) लहान घळ; दोन दोंगुल्ल्यांमदली रुखावळीची सुवात.

delta (n) नदयच्या तोंडाकडली त्रिकोनी भूय.

delude (v) तडडक करप; फटोवप; फुसलावन आड वाटेन व्हरप.

deluge (n) आकांताचो हुंवार; प्रलय; उटंगार; बुडटी.

delusion (n) भास; भूल; भ्रम.

deluxe (adj) उंची; चड बरी मांडावळ आशिल्लो; चड सूख-सोयींचो.

delve (v) कितेय सोदूंक थाव घेवप; खणप.

demagogue (n) लोकांक उचांबळावपी, चिथावपी फुडारी.

demand (v) हकावें मागप; अधिकारान मागप; • **demands (n)** (कामगारांच्यो वी) मागण्यो.

demarcate (v) शीम धारावप; नीस पुरप; मेरो घालप.

demean (v) नांव इबाडप; दशा वगडावप; घाणावप.

demeanour (n) वर्तन; वागणूक; चलणूक.

demented (adj) तकली घुंविल्लो; पिसो.

demi (adj) अर्दो.

demise (n) मरण; • **(v)** आपली आस्पत मृत्युपत्रान दिवप.

demobilise (v) सैन्याक (झूज नाशिल्ल्यान) हेर वावराक लावप; रजेर धाडप; सुटी दिवप.

democracy (n) लोकशाय; लोकशाय राष्ट्र.

demography (n) लोकसंख्याशास्त्र.

demolish (n) मोडून उडोवप; कोसळावप; मातयेभरवण करप.

demon (n) राकेस; सैतान; क्रूर मनीस.

demonstrate (v) देख दिवन दाखोवप; पडटाळो दिवप; □ लोकान निदर्शन करप; • **demonstration (n)** निदर्शन; □ दाखोवण; यंत्र बी कशें चलता ताची दाखोवण; प्रात्यक्षिक; निर्देशन.

demoralize (v) खटू जावप; मन पडप; खचप; खचोवप; • **demoralization (n)** मनोधैर्य वगडावप.

demote (v) सकयल्या पांवड्यार देंवोवप.

demur (v) हरकत घेवप; तयार नासप; न्हयकारप; फाटीफुडें येवप.

demure (adj) सभावान शांत; कालेतीन थंड; रीत-रविशेन चलपी; □ भायर एक भितर एक असो; देखाव्याचो.

demurrage (n) कळाव-पटी; स्टेशनार वा बंदरार पाविल्लो म्हाल व्हरूंक कळाव केल्लेखातीर भरपाची चडावत पटी.

den (n) रानवट सावदांची घोल; चोरांचें लिपून रावचेलें ठिकाणें; □ घरांतली अभ्यासाची कूड (एकांतवासाची).

denial (n) न्हयकार; नकारार्थी कळोवणी.

denigrate (v) अपकीर्त करप; बदनामी करप; नांवाक काळें लावप.

denominate (v) खाशेलें नांव दिवप; नांवान पाचारप; • **denomination (n)** मोलाप्रमाणें पयशांचें संबोधन (पांच रुपया; धा रुपया; पन्नास पयशे); कुळनांव, वर्गाचें नांव, आडनांव बी; □ नामधातू.

denote (v) अर्थ लावप; नांवान वा अर्थान समजिकाय दिवप; सुचोवप.

denounce (v) उकतेपणान आरोप करप; □ कबलात बातील जाली म्हणून जाहीर करप; आड उलोवप.

dense (adj) गच्च; दाट; अटंगें (रान); जंय उजवाड लेगीत रिगूंक कठीण असो (जागो); • **density (n)** दाटाय; (रुखावळीची, लोकाची) खिचकट.

dent (n) फोंड, रीग; चेप.

dental (adj) दांतांसंबंदीत; • **dentist (n)** दांतांचो वैज; • **denture (n)** दांतांची कवळी; नवे दांत; • **dentistry (n)** दांतवैजकी.

denude (v) नागडो करप; (रान) बोडकावप; उकतें करप.

deny (v) (गजाल, घडणी) न्हयकारप; खरी न्हय म्हणून सांगप; बासप; □ वंचीत करप.

deodorize (v) घाणीआड उपाय घेवप; • **deodorant (n)** वास (घाण) ना करपी पदार्थ.

depart (v) वचप; सोडून वचप; □ (गाडी) सुटप; • **departure (n)** वचप; सुटप; प्रस्थान; रवानगी; • **departed (adj)** भायर पडिल्लो; सोडून गेल्लो.

department (n) खण; खातें; विभाग; □ फांटो; • **department store (n)**

विविध वस्तू-भांडार.

depend (v) निवून रावप; विस्वासप; □ आधारान जियेवप; • **dependence** (n) पांग; पराधीनपण.

depict (v) बारीकसाणेन वर्णप; (वर्णनाचें) चित्र काढून दाखोवप.

deplete (v) रितें करप; सोंपोवप; सोंपमेरेन वापरप.

deplore (v) खंत पगटावप; निशेध मागप; निंदावप; • **deplorable** (adj) (दशा, करणी) सामकी वायट; खंतीची; धुरचुऱ्याची.

deploy (v) (सैन्याची) मांडावळ करप; व्यूह रचप; युद्धाचे तयारेन सैन्य मांडप.

deport (v) सरादेभायर धांवडावप; देसाभायर धांवडावप; • **deportation** (n) तडीपारी; सरादेभायर खानगी.

depose (v) गवाय दिवप; सोपूत घेवन मागप; □□ हुद्द्याबयल्यान मनाधाऱ्याक निखळावप.

deposit (v) (बँकेत वा) पयशे जमा करप; मुगुर दवरूंक दिवप; म्हालाचे मागणेपोटी पयली पयशे भरप; • (n) जमा केल्ली रकम; ठेव; □ (पोंदा जमिल्ली) कसय.

depot (n) म्हालाची कोठी; भांडार.

deprave (v) सभावाची वाट लावप; वायट वींद लावप; • **depraved** (adj) उणाक; पातकी; दुश्ट; वायट वींद लागिल्ली.

deprecate (v) नासती दाखोवप; उकती टिका करप.

depreciate (v) मोल देंवोवप वा देवप; निंदा करप; कुसकुटावप; उणो लेखप; • **depreciation** (n) झीज; घसारो.

depress (v) उमेद ना जावप; मन पडप; खिन्नपण; खिन्नटावप; खंती जावप वा करप; • **depression** (n) मंदी; □□ चेपणी; □ खिन्नटाय; नाउमेदपण.

deprive (v) काडून घेवप; वंचीत करप.

depth (n) खोलाय; अगढाय.

deputation (n) शिश्टमंडळ; प्रतिनिधीमंडळ.

derail (v) (रुळावयल्यान गाडी) घसरप; घसरावप; निसरप; निसरावप.

derange (v) गोंदळांत घालप; विमकटावप; □ पिसो करप; • **deranged** (adj) पिसो; तकली धुंवित्ल्लो.

derelict (adj) (नाका म्हण) सांडिल्ल्लो; वाऱ्यार सोडिल्ल्लो; वस्तू; पारपोळ; आनेमपेडडेर; धनी नाशिल्ल्लो; □ सांडिल्ल्लें तारूं; □ अप्रतिश्ठीत व्यक्ती.

deride (v) फकाणां मारप; बकच्छायो करप; हिणसावप; केणप.

derive (v) (खंयच्याय मार्गान गिन्यान, म्हायती, आनंद वी) मेळप; मेळोवप; तयार जावप; घडप; उपजप; उपजावप; • **derivation** (n) व्युत्पत्ती; उपपत्ती; • **derivative** (adj धातुसादीत.

derogate (v) मोल उणें करप; सवाय करप (आपणाक वी); पांवडो देंवोवप; उणाक धारावप; इज्जत काडप; • **derogatory** (adj) उणेपण हाडपी; मान उणो करपी; इज्जत काडपी.

descant (v) पाल्लाळीक उलोवप; गुणवर्णन करप.

descend (v) खाला देंवप; खाला येवप; सकयले दिशेन वचप; गळवज्ञा येवप; (वर्तनान) खाला देंवप; • **descent** (n) देंवती; देवणी; □ घुरी; □ कूळ; वंश; वशपरंपरा.

descendant (n) वंशज; संतत.

describe (v) उतरांनी मांडप; खाशेलें वर्णन करप; चितारून दाखोवप; • **description** (n) तोडी वा चितारून

केल्लें वर्णन; तरा.

descry (v) थाव लागप; नदरेक पडप; पयसुल्लें दिसप; दिसपांत, समजुपांत येस मेळप.

desecrate (v) वायट हेतून पवित्रताय भंगोवप; पवित्र सुवातेर हळशीक करप; बरी सुवात वायट कामाक वापरप.

desert (v) जागो सोडप; सोडून वचप; सांडून वचप; (सैन्यांतल्यान) पळून वचप; • (n) वाळवट; रेंवट; पडंग सुवात.

deserve (v) पात्र जावप; योग्य जावप; (करणेक, गुणांक बी लागून) फावो जावप; फावप.

desiccate (v) वाळगुवप; सुकोवप; जिनसांतलें उदक काडून तो तिगोवप; खाणाचो जिनस वतांत बी सुकोवप.

design (n) जें करपाचें आसा ताचें पूर्वचित्र; पूर्वचित्र तयार करपाची कला; एका जिनसाची थारिल्ली आकृताय; मनांतली येवजण; भेटेची वा घुरयेची पूर्व-आंखणी; • (v) जें करपाचें आसा तें चितारप; एकादऱ्या कामापासत येवजण तयार दवरप.

designate (v) खाशेल्या कामार नेमप; खाशेल्या नांवान पाचारप; • (adj) थारायिल्लो; नेमिल्लो पूण जाणें वावर हातांत घेवचो आसा असो; • **designation** (n) पदनाम; हुद्याचें नांव.

desire (n) इत्सा; उमेद; उफाडो; अत्रेक; • **intense desire** (n) उमळशीक; कींव; लूव; कूय.

desist (v) फाटीं सरप; आंग काडप; वावर थांबोवप.

desk (n) बरोवपाचें, वेव्हाराचें मेज.

desolate (adj) एकसुरो; खंती; इश्टांनी सोडिल्लो; □ पडंग; पाड.

despair (v) पुरायेन निर्शेवप; आस्त वगडावप; • (n) पुराय निर्शेणी.

despatch, dispatch (v) (मनीस वा वस्त) धाडप; (निरोप) पावतो करप; रवाना करप.

desperado (n) निर्शेवन कितेंय करपी मनीस; जिवार उठिल्लो खुनशी मनीस; • **desperate** (adj) निर्शेणेक लागून जिवार उठिल्लो; उबगल्लो; खुनशीपणान कितेंय करीत असो.

despise (v) तिरस्कार करप; उणाक लेखप.

despite (prep) अशें आसतना; अशें जावनूय; खेरीत; लेगीत.

despoil (v) चोरप; लुटप; बळान व्हरप.

despondent (adj) धिटाय वगडावन बशिल्लो; गळसणिल्लो; निर्शेल्लो.

despot (n) धरबंद सोडिल्लो सत्ताधीश; जुलमी राज्यकर्तो; • **despotism** (n) निरंकुशतावाद.

dessert (n) जेवणा उपरांतचें गोडशें; मुखशुद्धी.

destination (n) थाणें; निमाणें पेणें; जंय वचूंक, पावूंक जाय ती सुवात.

destiny (n) अदृश्ट; दैव; धार्जणें; कर्म; घडचें आसा तें.

destitute (adj) खावपाक-रावपाक नाशिल्लो; भुकेकंगाल; उपाशीं पोटार दीस सारपी; वाऱ्यार पडिल्लो; रस्ताद.

destroy (v) पाड घालप; मातये-भरवण करप; मोडून घालप; • **destroyer** (n) विनाशिका.

destructive (adj) विद्वाटो; विध्वंस करपी; • **destruction** (n) इबाड; नाश; तुळभंजन; विद्वाट.

detach (v) निखळावप; वेगळावप; मेकळो करप.

detached (adj) वेगळो; मेकळो; मोयपासापासून अलिप्त; • **detachment**

(n) अनासक्ती; □ वेगळावणी.

detail (n) फोडणिशी; बारिकसाण; तपशील; विसकावणी; • (v) फोडणिशी करप; विसकून सांगप; • **every detail** (n) इतंभूत म्हायती.

detain (v) आडावन दवरप; रावोवप; ताब्यांत दवरप; कळाव लावप; तडव लावप.

detect (v) (अमकीच पिडा बी म्हणून) तपासणेअंती कळप; सोद लागप; लक्षांत घेवप; सुनशा लागप; गुन्यावाचो सोद लावप; आगळीक करतना धरप; • **detection** (n) सोद; • **detective** (n) गुन्यावाचो गुमानीत सोद लावपी अधिकारी; गुप्त हेर; खबरकाडो.

detention (n) मनमुबेक वरचेपयलींची बंदखण; स्थानबद्धता; आडावणी.

deter (v) (कितेय करपापासून) ख्यास्तीचो धेंक घालून आडावप; दुबाव रिगोवन फाटीं ओडप; • **deterrent** (n) ख्यास्तीचो धेंक घालून मनांत रिगयल्ली भिरांत; आडावपी शस्त्र.

detergent (n) लुगटाचो बी म्हेळ काडपी पिठो, काप वा द्रव.

deteriorate (v) चड इबाडत वचप; (पिडा) अदीक जडार पडप; दुर्दशा जावप.

determine (v) (फुडार) धागवप; (प्रस्न) सोडोवप; निश्चय करप; कारण जावप; ताबो आसप; • **determination** (n) निर्धारण.

detest (v) तिरस्कार करप; वीट दिसप; सामको नाकासो दिसप.

detonate (v) फार, स्फोट घडोवन हाडप; सुरींग फुटप, फोडप; • **detonation** (n) विस्फोट; सुरींग फुटप; • **detonator** (n) विस्फोटक; सुरींग.

detour (n) भोंवताडो; फेऱ्यान वचपी मार्ग; आडवळणी मार्ग.

detract (v) (संपुर्णांतलो) वांटो काडप; फाटी सरप; मोल देंवोवप.

detriment (n) लुसकान; इबाड.

deuce (n) टेनिसांत खेळटल्या दोगांयचो स्कोर 40:40 जावप; □ दुको; □ काळ.

devalue (v) मोल देंवोवप; चलनाचें मोल उणें करप; • **devaluation** (n) अवमूल्यन.

devastate (v) सगल्याचो नाश करप; पाड घालप; सांवार करप.

develop (v) विकसप; विकास जावप; उदरगत करप, जावप; तरतराक पावप, पावोवप; □ (धंद्याचो) वाड करप; येवजण तयार करप; □ फिल्म धुवप; • **development** (n) उदरगत; विकास; तरतर; वाड; □ घडणूक; गजाल; प्रसंग.

deviate (v) (नीट वाट सोडून) आड वाटेन वचप; मूळ भूमिका सोडप; बदलप; • **deviation** (n) मार्गबदल; • **devious** (adj) आडमार्गी; मोडणाचो; □ धूर्त; नाढ.

device (n) जाय त्या कामापासत तयार केल्लें आवत; साधन; क्लृप्ती; युक्ती; हिकमत; • **devise** (v) मांडणी करप; युक्ती रचप; □ मृत्युपत्रांतल्यान आसपत दवरप.

devil (n) सैतान; म्हारू; □ दुश्ट मनीस; □ कली.

devoid of (adj) रितो; पोको; विरयत.

devolve (v) दुसऱ्यासुवादीन करप; जापसालदाराकी सोंपोवप; लागणूक जावप.

devote (v) (वेळ) दिवप; (वावराक) ओंपप; • **devoted** (adj) निश्ठावान; माया-मोग करपी; • **devotee** (n) भक्त; भगत; निश्ठावान; • **devotion** (n) भक्ती; निश्ठा.

devour (v) भकप; बकाबक खावप; गिळप; खावन सोंपोवप; वसवसपणान खावप;

घडाघडा झटपट वाचप.

devout (adj) देवधर्मी; धर्मिश्ट.

dew (n) दव; दवा-मोतीं; दवा-शिवर.

dextrous (adj) हातकारागिरींत कसबी; फिशाल; □ चलाख.

dhotee (n) पुडवें; धोतर; लुंगी; धोती.

diabetes (n) रगतांत साखर वाडोवपी पिडा; गोडें मूत; मधुमेह.

diagnose (v) पिडा रोग कसलीं तें तपासून थारावप; निदान करप; रोगपरिक्षा करप; • **diagnosis (n)** रोगनिदान.

diagram (n) आकृताय; एकादरी वस्त सारकी कळची म्हण चितारिल्लें चित्र.

dial (n) घडयाळीची तबकडी वा कसल्याय मेजणे-यंत्राचें मूख; टेलिफोनाचे घुंवडावपाचे आंकडे; • **(v)** टेलिफोन लावप; आंकडे घुंवडावप.

dialect (n) बोलीभास; पोटभास; प्रदेसाची उलोवपाची भास.

dialogue (n) संवाद; दोग वा चड जाणां मजगतचें उलोवणें; गजाली.

diameter (n) व्यास; बंद आकृतायेमदली ओळ.

diamond (n) वज्र; हिरो.

diarrhoea (n) परपरत भायर जावप; हागवण.

diary (n) दिसपटी; रोजनिशी; दैनंदिनी.

diatribe (n) झुपाटी; जळजळीत उलोवप; कुतां-वर्मा काडून उलोवप; तोंडी बाचाबाच.

dice (n) पाशे.

dichotomy (n) सारक्यो दोन वांटण्यो.

dictate (v) बरोवंक घालप; हुकूम पाळूंक लावप; • **dictation (n)** श्रुतिलेखन; शुद्धलेखन.

dictator (n) हुकूमशहा; • **dictatorship (n)** हुकूमशाय.

diction (n) उतरांचे उच्चार; उलयतना उतरांचो वापर; उलोवपाची वा बरोवपाची तरा.

dictionary (n) उतरांचो तेच भाशेंत वा दुसरे भाशेंत वर्णक्रमान अर्थ दिवपी ग्रंथ; शब्दकोश.

dictum (n) म्हण; ओपार; सांगणी.

die (v) मरप; सोंपप; भायर पडप; सोडून वचप; • **(n)** पासो; □ सांचो; आयट; मूस.

diehard (n) हट्टी व्यक्ती; कट्टरपंथी मनीस; आपलें चुकता म्हणपाचें कळून लेगीत आपलें तेंच खरें म्हणपी; खंवस.

diet (n) खाण-जेवण; अन्न; आहार; □ पथाचें खाण-जेवण; □ कांय देशांनी विधानमंडळ; मंत्रीमंडळ; • **dietetics (n)** आहारविद्या.

differ (v) (एकादरे वस्तूपरस) वेगळें आसप; मतभेद आसप, जावप; फरक आसप; • **difference (n)** मतभेद; मताचो वेगळेचार; □ बाकी; तफावत; • **different (adj)** तरेकवार; वेगळो.

difficult (adj) सोपो न्हय असो; कठीण; अवघड; समजूंक जड; • **difficulty (n)** कठिणाय; अडचण; आडखळ; विघ्न; संकश्ट.

diffident (adj) आत्मविस्वास नाशिल्लो; अनमनपी; फाटीं-फुडें जावपी; भिजूड.

diffuse (v) पसरावप; पसोवप; पातळावप.

dig (v) खणप; भूंय उस्तप; □ (पुस्तकांत बी) लक्ष घालप; • **dig superficially (v)** बोंचावप.

digest (v) जिरोवप; पचोवप; घोळोवप; • **(n)** बरपाचो सार; आपरोस; तात्पर्य; पुस्तकाचो वा बरपाचो संक्षेप; • **digestion (n)** जिरवण; पचन.

digit (n) हाताचें वा पांयांचें बोट; □ शून्य ते णव मेरेनचो खंयचोय आंकडो; स्थानांक.

dignify (v) इज्जत दिवप; इज्जत हाडप; भोवमान करप; पदवी दिवप; भोवमान फावता म्हण दाखोवप; • **dignity** (n) प्रतिश्ठा; इज्जत; अस्मिताय; संस्कारिता; वाडवीक; मानभोवमान; • **dignified** (adj) संस्कारीत; पकदस्त.

digress (v) उलयतना वा बरयतना वांवत वचप; विशयांतर करप; • **digression** (n) विशयांतर.

dike, dyke (n) बांद.

dilapidated (adj) मोडपाचे अवस्थेतलो; खिळखिळे आर्वातकायेचो; पाड जावक पाविल्ले अवस्थेतलो; उध्वस्त.

dilate (v) रुंदावप; पसरावप

dilatory (adj) संथ; वेळ काडपी (धोरण); दीर्घसुत्री.

dilemma (n) नाका आशिल्ल्या दोनांतलो एक वेंचून काडपाची परिस्थिती; □ पेंच; कुचमण; कचाटो.

diligent (adj) वेळच्या वेळार लक्ष दिवन शिकपी; मेनती; लक्ष दिवन काम करपी.

dilly-dally (v) वेळ वगडावप; दिर्घा लावप; कळाव करप; मेथरावप.

dilute (v) उदकांत विरगळावप; पातळ करप; निवळण करप.

dim (adj) मंद; अंधूक; □ (विचार) अस्पश्ट; • (v) मंद करप.

dimension (n) लांबाय, रुंदाय, उंचायेचें वी मेज-माप; जोख.

diminish (v) उणो करप; उणो जावप; (आवाठ वा आकार) देंवोवप.

diminutive (adj) लहान आकाराचो; सामको लहान; इल्लोसो; कुकुलो; मोगान लहानपण दिवपी विशेशण.

dimple (n) पोल्यावयली वा खाडकेवयली खळी.

din (n) बोबाट; कलकलाट.

dine (v) जेवप; • **dinner** (n) मुखेल जेवण; खाशेल्या जेवणाची कार्यावळ.

dinghy (n) तारवांबरोबर आसता तो पनेळ; बार्का फाटलो पनेळ.

dingle (n) खोल घळ.

dingy (adj) म्हेळो, विटिल्लो (कपडो); □ काळखाची (कूड).

dinky (adj) नदरेंत भरसारको; वेवस्थीत; नेटको; आकर्शक; नाजूक.

dint (n) चेप; धपको; • (v) चेपां घालप; • **by dint of** नाड्यार; साधनान.

diocese (n) डायोसेज; (क्रिस्तांव धर्मांत) बिशपाच्या अधिकारांतलो प्रदेस.

dip (v) बुडोवप; भिजोवप; बुचकळी मारप; दिपकावणी उणी करप; वाहनाच्या दिव्याचो झोत सकयले दिशेन करप; • (n) बुडी; बुचकळी; न्हाण; □ देंवनी; देंवणी; खोलाय; • **dipper** (n) (घो) डिप्पर; वाहनाच्या दिव्याचो झोत उणो वा सकयल करपाचें उपकरण.

diphtheria (n) घटसर्प; कांटेल.

diphthong (n) दोन स्वरांचो मेळ; संदीस्वर (ऐ, औ).

diploma (n) (घो) डिप्लोमा; परिक्षा पास जाल्ल्याचो दाखलो; दाखलो; सनद.

diplomacy (n) (परकी सरकाराकडेन) संबंद जुळोवपाचें आनी घट करपाचें कसब; परराश्ट्र वेव्हारांतली कुशळताय; □ सत्ता चलयतना वापरपाची चलाखी; • **diplomat** (n) राजदूत; राजकी वेव्हार हाताळपांत हुशार व्यक्ती; धोरणी मनीस.

dire (adj) भयंकर; चड वायट.

direct (adj) नीट; सरळ; एकेच वटेन;

• (v) वाट दाखोवप; वेव्हार-धंद्यांत मार्गदर्शन करप; सल्लो दिवप; हुकूम दिवप; • **direction (n)** आज्ञा; हुकूम; □ मार्गदर्शन; संचालन; दिग्दर्शन; □ दिशा; वट; • **directive (n)** आदेश-पत्र; हुकूम; • (adj) मार्गदर्शक (तत्वां); • **director (n)** संचालक; दिग्दर्शक; • **board of directors (n)** संचालक मंडळ; • **directorate (n)** संचालनालय; संचालकाचें कार्यालय; • **directory (n)** मार्गदर्शिका; • **telephone directory (n)** टेलिफोन नंबर आनी टेलिफोनासंबंदीत हेर म्हायती आशिल्ली पुस्तिका.

dirt (n) घाण; म्हेळ; हळशीक; चिखल; रेबट; खातोण; • **dirty (adj)** घाणयारो; म्हेळो; मचकटो; बुरसो; □ पोजडो.

disability (n) असमर्थपण; • **disabled (adj)** अपंगूळ; पांगळो; योग्यताय नाशिल्लो.

disadvantage (n) अडचणीची परिस्थिती; हिताचें तुसकान; अहीत.

disagree (v) मान्य नासप; मतभेद जावप; न्हयकारप; • **disagreement (n)** मतभेद; जुळना अशी स्थिती.

disallow (v) आडावप; मना करप; न्हयकारप; बातील करप.

disappear (v) दोळ्यांआड जावप; दिसना जावप; नाच्च जावप; शेणप; अदृश्य जावप.

disappoint (v) नाराज करप; निराश करप; आस्त भंगोवप; उमेद काडप; • **disappointment (n)** निर्शेणी; नाराजी.

disapprove (v) नापसंत करप; □ (घडणी, कर्तूब) चूक वा वांकडें मानप.

disarm (v) शस्त्रां काडून घेवप; शस्त्रविरयत अवस्था करप; □ राग देंवोवप; मोग जोडप; • **disarmament (n)** निशस्त्रीकरण.

disarrange (v) जळामळा उडोवप; अस्ताव्यस्त करप; विसकटावप.

disarray (n) सैन्याची दानाधिसपट; पळापळ; □ गोंदळ; अवेवस्था.

disaster (n) अनर्थ; अरिश्ट; म्हान संकश्ट; आकांताची परिस्थिती; सर्वनाश.

disavow (v) न्हयकारप; आपणाक कांय खबर ना म्हणप.

disband (v) (संस्था) बातील करप; बरखास्त करप; (सैन्य) विसकटावप; मोडून घालप.

disbelieve (v) दुबावप; विस्वास नासप; फट मानप; • **disbelief (n)** दुबाव; अविस्वास.

disburse (v) (दुडू) पदरचे फारीक करप; दिवन मेकळो जावप.

disc, disk (n) (घो) डिस्क; तबकडी; तठल; चक्र; बिंब.

discard (v) काडून उडोवप; (उपकरना म्हणून) कुशीक उडोवप; (व्यसन) सोडप; • **discarded (adj)** त्यागिल्लो; सोडिल्लो.

discern (v) मन वा इंद्रियांमार्फतीन उमजप; उमजून घेवप; थाव लागप; पयसुल्ली वस्त स्पश्ट पळोवप; भिन्नताय वळखप; तफावत कळप.

discharge (v) मेकळो करप; वचूंक दिवप; (लागणुकेक) पाळो दिवप; (नोकरेवयल्यान) निखळावप; बोटींतल्यान देंवोवप (म्हाल बी); रिणामेकळो जावप; तीर सोडप; फार मारप; • **(n)** उद्रेक; मोखणी; विसर्जन; मेकळीक.

disciple (n) शिश्य; अनुयायी; भक्त.

discipline (n) वळण; शिस्त; शिक्षण; शास्त्र; □ नेम; रीत-रवीस; □ अभ्यासाचो

विभाग; विशय; • (v) शिस्त लावप.

disclaim (v) हक सोडप; आपलें न्हय म्हण सांगप; आपणाक लागना म्हणप; नाका म्हणप.

disclose (v) उकतेपणीं सांगप; उगडाप करप; उकताडा हाडप; गमोवप; दाखोवप; परगटावप.

discolour (v) रंग इबाडप; रंग उबप; रंग विटप.

discomfort (n) अस्वस्थताय; उचांबळाव; बेचैनी.

disconcert (v) दुसऱ्याक सतावप; थरारवितर करप; येवजण फिस्कटावप; कामांत विघ्न हाडप.

disconnect (v) निखळावप; वेगळावप; सबंद तोडप; □ (विजेचे वी कनेक्शन) तोडप.

disconsolate (adj) खंती; निर्शेल्लो; उमेद वगडावन बशिल्लो.

discontented (adj) असंतुश्ट; रिंगणो; खोशी जायना असो.

discontinue (v) आडावप; थाबप; थांबोवप; सोंपप; सोंपोवप; बंद करप; मना करप; चलतालो तो सोडप (वायर वी).

discord (n) वितुश्ट; वांकडेपण; दुमत; वेगळेचार; जमनाशिल्ली सुरावट; बेमूर अवस्था; • **discordant** (n) विसंवादी; विसंगत.

discount (n) सूट; सवलत; कसर; • (v) सूट दिवप; दखल घेनासतना रावप; विस्वास नासप.

discourage (v) फाटी ओडप; (अमकेच) करू नाका म्हणून सांगप; उमेद काडप; कांच घालप.

discourteous (adj) उर्मट; असभ्य; मान राखिनाशिल्लो.

discover (v) सोद लावप; गवसप; गावप (मेळप); • **discovery** (n) सोद; (प्रयत्नान, अभ्यासान) सोदून काडिल्ली गजाल.

discredit (v) पत, नांव इबाडप; घाणावप; विस्वास वगडावप; बदनामी करप.

discreet (adj) धोरणी; शिटूक; सादर; समजिकायचो; शितिदान पावल घालपी.

discrepancy (n) फरक; भेद; अंतर; बेसुराय; मेळ नासप.

discretion (n) समजिकाय; वायट बरें धारावपाची कुवत; मुखावयलें येवजुपाची नदर.

discriminate (v) वेगळावप; दावें-उजवें धारावप; □ पक्षपात करप; □ समजिकाय दवरप; • **discriminating** (adj) समजिकायचो, बारिकसाणेचो; तारतम्य बाळगुपी; □ पक्षपाती.

discursive (adj) (उलयतना) खंयचे खंय व्हावपी; विशयांतर करपी; □ तर्कांचेर आधारिल्लो.

discuss (v) चर्चा, भासाभास करप; चर्चेक विशय घेवप; • **discussion** (n) भासाभास; वाटाघाटी.

disdain (v) मान फावना अशें लेखून उणाक मानप; हिणसावप; तुच्छ मानप; • (n) तिरस्कार; तुच्छताय.

disease (n) पिडा; रोग; दुर्येस; वायट; विकृती; • **diseased** (adj) पिडेस्त; वायटकार.

disembark (v) बोटींतल्यान धक्यार देंवप.

disenchant (v) भूल काडप; भ्रम देंवोवप; बचक्यांतल्यान सोडोवप; (तायर्णेतल्यान) जागो करप.

disengage (v) मेकळो जावप; करप; बांदपासांतल्यान सोडोवप; सुटप; घुसपर्णेतलो भायर सरप; उलगडो जावप.

disfigure (v) विद्रूप करप; सोबिताय इबाडप.

disgorge (v) ओंकप; धुंवर सोडप (तोंडांतल्यान, धुंवराळ्यांतल्यान); चोरयेचो म्हाल परत करप.

disgrace (v) अपमान करप; दशा वगडावप; (नाकाक) काळें लावप; • **(n)** (नांवाक) काळें, खत; अपेस; बदनामी; अपमान; □ तकली सकयल घालपासारकी गजाल.

disgruntled (adj) असंतुश्ट; जाय तें मेळना म्हण खंती; त्राशीक.

disguise (v) (फटोवपाखातीर) भेस, रूप बदलप; सवंग घेवप; • **(n)** सवंग; रुपडें.

disgust (n) वीट; उबगण; कंटाळो; शिसारी; • **(v)** विटप.

dish (n) बशी; तबकडी; ताट; □ (घो) डीश; खाणाचो खाशेलो जिनस; परखन्न.

dishearten (v) उमेद नश्ट करप; गळसणावप; निर्शेणी हाडप.

dishonest (adj) अप्रामाणिक; कपटी; बयमान.

dishonour (v) अपमान करप; अपकीर्त करप; लजेक घालप; (दिल्लो चेक वा हुंडी बँकेंतल्यान बी) परत येवप.

disillusion (v) भ्रम देंवप; देंवोवप; मस्ती जिरप; जिरोवप.

disinfect (v) रोग-जंतूपासून निवळ करप; शुद्ध करप; • **disinfectant (n)** जंतूनाशक.

disinherit (v) मरणाउपरांत आपल्या भुरग्यांक इस्टेट मेळचिना अशी बंदिस्ती करप; येरांस दिवंक न्हयकारप.

disintegrate (v) कुडके जावप, करप; वादऱ्यो जावप; पिठो जायत वचप; विघटन जावप, करप; घटक वेगळे जावप; एकवट भंगप; • **disintegration (n)** विघटन.

disinterested (adj) उजू; निर्मळ; जाका सुवार्थ ना असो; □ अलिप्त; जाका कांय लागना असो; जाका कित्यांत रूच ना असो.

dislike (v) वीट दिसप; आवड नासप; नाका दिसप; तिरस्कार दिसप; • **(n)** नावड; वीट.

dislocate (v) (हाड, सांदो) निखळप; निखळावप; सुवातेवयलो हालप; हालोवप.

dislodge (v) भायर घालप.

disloyal (adj) निश्ठाहीन; द्रोही; बयमान.

dismal (adj) खंती; उमेद वगडावन बशिल्लो; सुतकी कसो.

dismantle (v) यंत्राचे वा घडयल्ले वस्तूचे भाग वेगळावप; विसकळावप; मेकळे करप.

dismay (n) अडचणीक वा भयाक लागून निर्शेणी; गळसणणी; खंत; • **(v)** निर्शेणी हाडप; निर्शेणेन भरप.

dismember (v) कुडीचे भाग तोडप, वेगळावप; कुडके करप; □ देशाचे कुडके करप; □ वांगड्यांचें संस्थेंतलें वांगडीपण रद्द करप.

dismiss (v) कामावयल्यान काडून उडोवप; नोकरेंतल्यान बडतर्फ करप; (कोर्टान) भायर उडोवप.

dismount (v) घोड्यावयल्यान वा गाडयेंतल्यान देंवप.

disobedience (n) आज्ञाभंग; अवज्ञा; वरिश्ठान केल्लो हुकूम मानिनास्तना रावप; • **disobey (v)** हुकूम, आज्ञा मोडप; (कायदो) मोडप; फर्मावणेक पाळो दिनासतना रावप.

disorder (n) गोंदळ; अवेवस्था; अस्ताव्यस्तपण; □ पिडा; भलायकेंत इबाड.

disorganise (v) मांडावळ विसकटावप;

अस्ताव्यस्त करप; चलतालें तें मोडप.

disown (v) आपलें न्हय म्हणप; जें आपलें तें त्यागप; न्हयकारप; बासप.

disparage (v) अनादर करप; उणाक समजप; किरकोळावप; वांकडें उलोवप.

disparity (n) असमानताय; अंतर; तफावत; वेगळेपण.

dispassionate (adj) उचांबळ जायना असो; गर्द; थंड; शांत; □ उजू; तटस्थ; तिरायत.

dispatch, despatch (v) (मनीस वा वस्त) धाडप; पावतो करप; खावना करप.

dispel (v) ना करप; पयस करप; धांवडावप; काडून उडोवप.

dispensary (n) (घो) डिसपेन्सरी; वैजाचो दवाखानो.

dispensation (n) वितरावणी; वांटणी; व्यास्तीपासून मुटका; तयारी; • **dispense** (v) दिवन उडोवप; मेकळीक दिवप; वांटप; जें करूक फावना तें करूक दिवप; वगळप; वर्जप.

disperse (v) वेगळ्या वाटांनी वचप; वेगळे जावप; शिवगावप; पसरप; पसरावप; हुसकावप; आमडप; फापडप.

dispirited (adj) उमेद नाशिल्लो.

displace (v) जाग्यावयलो हालोवप; अधिकारावयलो निखळावप.

display (v) मांडप; प्रदर्शन करप; • (n) माड; माडावळ; प्रदर्शन; दाखोवण.

displease (v) मन मोडप; नाराज करप; दुखोवप; दुस्ख दिवप; राग हाडप.

disport (v) मनमौजा करप; आपली रिजवण करप; वेळ सारप.

dispose (v) दिवन उडोवप; दिवप; विकप; विलो लावप; सारकें मांडप; तयारी आसप; □ मत घुवडावप; • **disposable** (adj) वापरले उपरांत भायर उडोवं येत असो; □ खर्चाक हाताकडेन आशिल्लो; • **disposal** (n) विलो; □ बंदिस्ती; मांडणी; □ निर्णय; □ विक्री; □ सुवादीन आशिल्ली वस्त.

disposition (n) मांडणी; दाळणी; सभावगुण; भलायकी; आवतिकाय; मनाची अवस्था.

dispossess (v) आशिल्लें काडून घेवप; नागोवप; खांकनवाळ करप.

disproportionate (adj) असमान; विखण; विजोड.

disprove (v) लटकें म्हणून सिद्ध करप.

dispute (n) वितुश्ट; किजील; प्रस्न; मतभेद; • (v) उलोवन मतभेद परगटावप; विरोध करप.

disqualify (v) अपात्र धारावप; अयोग्य धारावप.

disquiet (v) काचावून जावप, करप; सस्तताय वगडावप; हुसकेवप; • (n) कांच; चिंता; हुसको.

disregard (v) उवेखप; दुर्लक्ष करप; अनादर करप.

disreputable (adj) नांव घाणायल्लो; लोकीक नाशिल्लो.

disrespect (v) अपमान, अनादर करप.

disrobe (v) आंगावयलीं वस्त्रां काडप; अधिकाराचीं वस्त्रां काडप.

disrupt (v) (बसका, सभा वी) विमकटावन उडोवप; चलता तें मोडून घालप.

dissatisfaction (n) असमाधान; असंतुश्टताय.

dissect (v) (तपासणेखातीर, अभ्यासाखातीर) कूड कातरप; कुडके करप; फोडणिशी करप; • **dissection** (n) विच्छेदन.

dissemble (v) (मनांतली गजाल, हेतू) लिपोवप; आसा वा दिसता तसो न्हय

अशें भासोवप.

disseminate (v) शिवरप; शिपडप; फापडप; □ प्रचार करप.

dissension (n) मतभेद; फूट; वितुश्ट; वांकडेपण; वेगळावो.

dissent (n) मतभेद; असहमती; • **(v)** विरोध करप; मान्य ना म्हणून सांगप; अमान्य करप.

dissertation (n) लांब विमर्सो; विद्यापिठाचे ऊंचेले पदवेपासत सादर केल्लो प्रबंध.

dissimilar (adj) असमान; वेगळो; जातीन वेगळो; विखण.

dissimulate (v) फटोवप; सत्य लिपोवप; घात करप; हेतू लिपोवप.

dissipate (v) (भय वा दुबाव) पयसावप; काडून उडोवप; दुडू कशाकसो मोडप; नश्टखर्च करप; फोल्गां मारप; आरोग्य इबाडप.

dissociate (v) संबंद तोडप; वांगड सोडप; कडसरप; कुशीक सरप; वेगळो जावप.

dissolute (adj) वीद लागिल्लो; व्यभिचारी; वांकडे चालीचो.

dissolve (v) खिरप; खिरोवप; विरप; विरगळप; विरगळावप; सोंपोवप; रद्द करप; विसर्जीत करप; बरखास्त करप.

dissuade (v) (पटोवन) आडावप; जें करूंक वता तें चूक म्हणपाचें समजावन फाटीं ओडप; मना करप; परावृत्त करप.

distance (n) अंतर; पयसाय; लांबाय; • **distance extended between thumb and little finger (n)** वेंत; • **distant (adj)** पयशिल्लो; फाटीं वा फुडें चड अंतरार आशिल्लो; • **distant land (n)** कोकस्थान.

distasteful (adj) पचपचीत; सयसुवाद नाशिल्लो; नाका असो.

distemper (n) वणटीचो रंग; □ सुण्यांक बी जावपी एक पिडा; • **(v)** विसकटावप.

distillery (n) सोरो गाळपाचो कारखानो; सोऱ्याची भाटी.

distinct (adj) खेरीत; स्पश्ट; उठाव.

distinction (n) भेद; अंतर; विशेशताय; प्रतिश्ठा; येस; व्हडवीक; व्हड येस जोडिल्ल्याची खुणा.

distinguished (adj) नामनेचो; फांकीवंत.

distort (v) विकृत करप; विद्रूप करप; अर्थाचो अनर्थ करप; मुजरत चूक अर्थान सांगप; • **distortion (n)** विकृती; अर्थाचो अनर्थ.

distract (v) लक्ष पेल्यान, दुसरेकडेन ओडप; ध्यान मोडप; गोंदळावप; काचाबूल करप.

distraught (adj) चड हुसक्यांत आशिल्लो; चड चिंतेस्त; चिंतेन पोखरलेलो.

distress (n) दगदग; दुख्ख; व्यथा; कश्ट; तळमळे; □ गरजेच्या वस्तूंचो उणाव; अडचणीची परिस्थिती, अपसरण; • **(v)** दुख्ख करप, दिवप; दगदगावप.

distribute (v) वांटप; वितरावप; पसरावप; वर्गावारी करप; • **distribution (n)** वांटणी; प्रसार; वितरण; • **distributor (n)** वितरक.

district (n) जिल्हो; राज्याचो वांटो.

distrust (n) अविस्वास; दुबाव.

disturb (v) उचांबळावप; शांतताय इबाडप; चाळोवन घालप; भेश्टावप; कलकलावप; आडखळ हाडप; अस्ताव्यस्त करप; • **disturbance (n)** उचांबळाय; अशांती; • **disturbing (adj)** अशांत करपी.

disunite (v) वेगळावप वा वेगळो जावप;

फूट घालप.

disuse (v) वापर बंद करप.

ditch (n) मार्गाकुर्शीतली खळी; शेतांतलो पाट; चर; • **(v)** चर खणप, निवळ करप; □ गाडी खळयेंत पडप; □ अडचणींत सांपडिल्लें विमान उदकांत देंवोवप.

ditto (n) तशातसो; वयर आसा तसो.

ditty (n) गीत; पद.

dive (v) उदकांत बुडी मारप; सूर मारप; □ विळांत गेल्लेभाशेन नाच्च जावप; • **diver (n)** पाणबुडो; उदकांत भितर भोंवपी मनीस.

diverge (v) वेगळ वाटेन वचप; वचप; दूमत जावप; मतभेद जावप; वेगळो जावप; • **divergence (n)** वेगळी वाट; □ भेद; अंतर.

diverse (adj) तरकवार; विगड-विगड; जिनसांवार; □ वेगळे; • **diversity (n)** विविधताय; वेगळेपण.

divert (v) दुसरे वटेन वचप; लक्ष दुसरे वटेन ओडप; दुसऱ्या वाजाक लावप; □ रंजवप; रिजोवप; रमोवप.

divest (v) दुसऱ्याच्या अंगावयलीं मनेचीं वस्त्रां, वस्ती वी देंवोवप; मना काडून घेवप.

divide (v) भागप, वाटप; वर्गवारी करप; भागाकार करप; फूट घालप; मोडटो घालप; • **(n)** वेगळावपी मेर.

dividend (n) फायद्याचो वांटो; लाभांश.

divine (adj) दिव्य; दैवी; पवित्र; बेस वो; • **divinity (n)** ईश्वर; देवदेवता; □ देवल, □ धर्मशास्त्र; देवाधर्मांसबद्दलचे शास्त्र.

divisible (adj) वाटे करूक मेळटा अशा; • **division (n)** अंश; वांटणी; वांटो; □ फूट; मतभेद; □ पांवडो; □ विभाजन, भागाकार; □ सैन्यदळ; □ पंगड; • **divisor (n)** भाजक.

divorce (n) घटस्फोट; सोडचीट; • **(v)** घटस्फोट घेवप, दिवप; सोडचीट दिवप; □ वेगळावप.

divulge (v) उकलाडा हाडप; गुपीत फोडप; प्रसिद्ध करप.

dizziness (n) घुंवळ; गिरगीर; तकली चिर्र जाल्ली अवस्था.

do (v) करप; तडीक पावोवप; पाळो दिवप; पुरय करप; तयार करप; काम करप; • **do away with** ना करप; जिवानशीं मारप; • **do one's best** प्रयत्न करून जाता तितलो बरो (वावर) करप; • **do without** (ता)चे बगर काम चलोवप; त्यागप; • **have to do with** संबंद दवरप; • **doer (n)** कृती, करणी करपी; कर्तो.

docile (adj) मागिल्लें आयकपी; नम्र; लहानांवकायचो; ममजीक; नवें शिकपी.

dock (n) (घो) डॉक; धक्को; गोदी; पाज्ज; □ न्यायालयातलो आरोपीचो पांजरो; • **dockyard (n)** वांटी बादपाचो वा सरी करपाचो धको (कारखानो).

doctor (n) (घो) डॉक्टर; विद्यापिठाची ऊंचली पदवी जोडपी व्यक्ती; □ दोतोर; वैद्य; पिडेची चिकित्साय करून वखद फर्मावपी व्यक्ती.

doctrine (n) शिक्षण; तत्व; राजकी वी सिद्धांत; इगर्जेचे वी धर्मसिद्धांत.

document (n) दुकमेंत; म्हत्वाचीं कायदेशीर कागदपत्रां; म्हत्वाचे बरपावळीची फोल; दस्ताऐवज; • **(v)** नोंद करप.

documentary (n) लहान फिल्म; म्हायतीपट.

dodder (v) म्हाताऱ्याभाशेन कडकडप; धरथरप.

dodge (v) (धपको चुकोवंक वा फाटल्यान लागल्यात तांकां चुकोवंक) बाग घेवप; कृशीन सरप; आड सरप, आड रावप;

लिपप; □ टाळप; कूस मारप; कर्तव्य बी चुकोवप; • **(n)** तड्डक; आडकां-नाडकां; • **dodger (adj)** चलाख; बिलंडर.

dog (n) सुणें; सुणो; पेटो; कुत्रो; • **(v)** फाटीक लागप; फाटोफाट वचप; • **dogged (adj)** फाट सोडिना तसलो; हातांत घेतिल्लें तडीक व्हरपी; अडचणीक बदना तसलो; घट थारावणेचो; □ हिंचण; चिकटो.

dogma (n) जें मानलां तातूंत बदल जायना अशें धर्मतत्व; धर्मसिद्धांत; भावार्थ; • **dogmatic (adj)** कट्टरपंथी; आपलें तेंच खरें म्हणपी; भावार्थवादी.

dole (n) दान; भिक्षा; भीक; • **unemployment dole (n)** सरकाराकडल्यान बेकारांक मेळपी अर्थीक मजत; बेकारभत्तो.

doll (n) बावलो; बावली.

dollar (n) डॉलर.

dolorous (adj) दुख्खदिणो; दुखेस्त; खंती.

dolphin (n) दर्यांतलें एक व्हड नुस्तें.

dolt (n) पिसाय; एंडो; बोंडेर.

domain (n) शेकातळाचो वाटार; मुलूख; प्रांत; □ शेक; सत्ता; धनीपण; □ वावराची सुवात.

dome (n) घुमटी; क़ळस.

domestic (adj) घराचो; घरांतलो; □ स्वदेशी; □ पोशिल्लो; • **domestic appliance (n)** घरांत वापरपाचें उपकरण. **domicile (n)** सदची रावतिका; घर करून रावला ती सुवात; • **domiciliary (adj)** निवासी.

dominate (v) सत्ता गाजोवप; शेकातळा दवरप; चेपणाखाला दवरप; प्रभाव चलोवप; वर्चस्व आसप; • **dominion (n)** धनीपण; शेक; सत्ता; प्रभाव; वर्चस्व; नियंत्रण; □ वर्चस्वाखाला आशिल्लो देश.

don (v) न्हेसप; • **(n)** एक उपाधी; □ सज्जन; बरो मनीस; तज्ञ; □ प्राध्यापक; □ दादा.

donate (v) दान दिवप; देणगी दिवप; पटी दिवप; गवन दिवप; • **donation (n)** दान; देणगी; पटी; गवन; • **donee (n)** दान घेवपी; • **donor (n)** देणगी, पटी दिवपी; रगत दिवपी.

donkey (n) गाढव; □ पिसो; खुळो; मूर्ख.

doodle (v) (फोलीचेर बी) बिरबिटावप.

doom (n) दुर्भाग्य; वायट नशीब; अदृश्ट; □ सत्यानाश; मरण; सांवार; • **(v)** ख्यास्त दिवप; दंड लावप; • **doomsday (n)** मनसुवेचो निमाणो दीस; निमाणो निर्णय.

door (n) दार; दरवटो; कवड.

dormant (adj) न्हिदिल्लो; निश्क्रीय; □ सुप्त.

dormitory (n) जंय चड जाण न्हिदूंक शकतात अशें साल.

dorsal (adj) फाटीचो; फाटलो.

dose (n) (घो) डोझ; (वखदाचो) वांटो; घोंट; मात्रा; घांस; (उपदेशाचो) डोझ.

dossier (n) व्यक्ती वा प्रसंगाविशीं पुंजायल्ली खबर.

dot (n) तिकली; तिबो; टिंब.

dotage (n) बाळबुद्द; जाणटेपणांतलें सैरभैरपण; मोगपिशें; म्हातारचळ.

dote (v) मोगपिशें लागप; मोगाचें चळ लागप.

double (adj) दोट्टी; दुपेट; दुणे; (वागपांत) दोन तरांचो; तड्डकी; □ जोड; जोडी; • **(v)** दुपेट करप; दोन पटींनी वाडोवप; • **double role (n)** (नाटकांत, फिल्मांत) एकल्याक दोन कामां.

doublet (n) एकेसारके जोडयेंतलो एकलो; □ गंजीफ्रॉक; बानयान; जॅकेट.

doubt (n) दुबाव; अविस्वास; • (v) दुबावप; भरवंसो, खात्री नासप.

douche (n) न्हावपाक वापरपाची उदकाची धार वा शिवर; पिचकारी; चिपनळी.

dough (n) मळिल्लें, कालयल्लें पीठ; □ दुद्द.

dour (adj) (मतान) कटटर; मत बदलूंक तयार ना असो.

douse (v) दिवो उदकान पालोवप; वाडोवप; □ उदकांत उडी मारप; उदक ओतोवप.

dove (n) पारवो; पारवीण; • **dovecote** (n) पारव्यां-घुड; पारव्यां-घर.

down (adv) सकयल; खाला; फाटी; • (prep) सकयले वटेन; भितर; • (v) सकयल उडावप; ओडप; देंवप; देंवोवप; • (n) मड्डी; □ शेवण्याच्या पोटाकडलीं नाजूक न्हान पाखा; □ लव; □ मिमरूड.

downfall (n) पराजय; विध्वंस; सत्यानाश; पाड; • **downpour** (n) पावसाचो उटंगार; उटागाचो पावस; • **downtrodden** (adj) चिड्डल्लो; माड्डल्लो; माडयल्लो; • **downwards** (adv) सकयले वटेन; सकयल.

dowry (n) वरदक्षणा; हुंडो; दोत.

doyen (n) म्हालगडो; जाणटो.

doze (n) झेम, लकणी; • (v) झेमप; झेम काडप; दोळ्याची पाती लावप, लागप; दोळो लागप.

dozen (n) बारा नग.

drab (adj) चिटको; मचकटो; मन पडटा तसल्या रंगाचो.

draft (n) (घो) ड्राफ्ट; हुंडी; धनादेश; खड्डो; मसुदो; प्रत; • **draftsman** (n) नकसो वा आकृताय चितारपी; मसुदो तयार करपी; • खाशेल्या कामापासत धाडिल्ली सैन्याची तुकडी.

drag (v) बळ लावन ओडप; (भुंयेर) सरपटप; दिगां लावप; मेथरावप; कंटाळो हाडप.

dragon (n) एक कल्पीत सोरपाभाशेन प्राणी जाका पांखां आनी नाखटां आसतात आनी जो उजो ओंकता; □ क्रूर मनीस; • **dragonfly** (n) बिरमूट.

drain (n) खळी; चर; पनेळ; पाट; व्हावती; • (v) उदक वचूंक दिवप; निसतावप; • **drainage** (n) घाण उदक वी व्हांवन वचपाचो चर; कान; पायपां; □ (पयशांची) व्हांवती.

drama (n) नाटक; खेळ; □ नाटकांतले भाशेन प्रत्यक्ष प्रसंग; नाट्य; • **dramatize** (v) नाटकासारको करप; नाट्यरूप दिवप; • **dramatic** (adj) नाटकांतले भाशेन अचकीत घडिल्लो आनी अजापाचो (प्रसंग).

drape (v) लुगटांत गुठलावप; आंगलें घालप; • **draper** (n) लुगटां विकपी; लुगटाचो, सणंगाचो व्यापारी; • **drapery** (n) सणंग; सणंगाचो व्यापार.

drastic (adj) कडक; खर; जबर; गंभीर.

draught (n) वाऱ्याचो झोत; □ बोटींतसत उदकाची खोलाय; □ घोंट; □ पुंजो; □ चित्र; आकृताय; नकसो.

draw (v) (गाडी) ओडप; (पगार; अदमास; स्वास) घेवप; (रोस) काडप; चित्र काडप; • (n) (कोणाकूच) जैत मेळनासतना सोंपिल्लो खेळ; □ सोर्तीचो निकाल.

drawback (n) अपुर्णाय; आडावण; उणेपण; अडचण; कूत; दोश.

drawbridge (n) बोटींक वाट मेळची म्हणून आयत्यान ओडूंक जाता वा कवळूंक जाता तसलो पूल.

drawer (n) मेजाचो वा आरमारीचो खण; गवेत.

drawing (n) काडिल्लें चित्र; रेखिल्ली आकृताय.

drawing-room (n) घरांतली बसपाची कूड; साल.

drawl (v) हेळ काडून उलोवप.

dread (v) चड भियेवप; हुसक्यान जियेवप; • **(n)** आकांताचो भय वा हुसको; • **dreadful (adj)** भिरांकूळ; भयांकृत.

dream (n) सपन; • **(v)** न्हिदांत सपन पळोवप; सपनेवप; फुडाराचीं सपनां पळोवप; • **small dreams (n)** जळप्यो; • **speak in dream (v)** वथरेवप.

drear, dreary (adj) खंती; सुतकी कसो; उमेद नाशिल्लो; □ एकमुळो; वाजवाजावणो.

dredge (v) यंत्रबोटीच्या पालवान न्हंयंतलो चिखल काडप; • **(n)** ह्या कामाचें यंत्र; • **dredger (n)** न्हंयंतलो चिखल उसपुपी यंत्र लायिल्ली बोट.

dregs (n) गाळ; मूर; पोंदचो रेबो.

drench (v) ओलें चिप्प करप; □ जनावराक बी वखद पियेवंक लावप; • **(n)** वखदाचो वांटो.

dress (n) न्हेसणां; वस्त्रां; आंगावलीं; • **(v)** न्हेसप; सजप; □ चवन, घाय बी धुवन फाळी बांदप (ड्रॅसींग करप); • **dresser (n)** नाटकां, सिनेमांतल्या कलाकारांक न्हेसोवपी; □ शस्त्रक्रियेउपरांत जखम, फाड बांदपी नर्स; □ रांदचेकुडींतली ताटांवाटयो बी दवरपाची आरमार; • **dressmaker (n)** कपडे शिंवपाचो वेवसाय करपी दर्जी (खासा करून कलाकारांचे, बायलांचे); • **hair dresser (n)** केंस-रचणूक करपी.

dribble (v) थेंबथेंब गळप; पगळप; पातेवप; पोंवप; □ ल्हान भुरग्याची लाळ गळप; □ फुटबॉलांत, हॉकींत पेल्ल फुडें-फार्टी हालोवन फटोवप.

drift (v) व्हांवप; व्हांवोवप; व्हांवत वचप; सवकास उफेत वचप; □ रास जावप; राशीर काडप; □ पयसावप; □ येवजिनासतना चलत रावप.

drill (n) (घो) ड्रील; बुराक, बोंथो करपाचें आवत; □ कवायत; कसरत; □ दाट जोगटें लुगट; • **(v)** बोंथो, बुराक करप.

drink (v) पियेवप; सोरो पियेवप; • **(n)** (घो) ड्रिंक; पियेवचेलें; पेय; पिवन; • **hot drink (n)** सोरो बी; • **soft drink (n)** सरबत बी; • **drink fast (v)** ढोंकप; गटागटा पियेवप.

drip (n) थेंबो; • **(v)** थेंब्यांनी सवकास पडप; पातेवप; पोंवप; गळप.

drive (v) आमडप; धांवडावप; □ गाडी चलोवप; □ खिळो धाडावप; • **(n)** मोटारींतल्यान इल्लोसो प्रवास; भोंवडी; □ प्रचार; मोहीम; चळवळ; प्रेरणा; फुरफुरो; • **driver (n)** गाडी चलोवपी; सारथी; (घो) ड्रायवर.

drivel (n) लाळ; □ पचपचीत उलोवणें; • **(v)** लाळ गळप; □ बडबडप; भरभरप.

drizzle (n) बारीक पावस; कुंडो कसो पावस; शिडशिडो; • **(v)** पावस शिडशिडप; शेनप.

droll (n) विचापात्र; झेंडफकाण; विक्षिप्त मनीस; • **(v)** मस्कऱ्यो करप; फकाणां मारप; हांसोवप.

drone (n) आळशी, सुस्त मनीस; उबगण्या- सवंग; □ गांजील (नर); • **(v)** मुसांभशेन गूं-गूं करप; कानाकडेन कूं-कूं करप; गुणगुणप; □ आळसायेन दीस सारप; दुसऱ्याच्या नाड्यार जियेवप.

droop (v) मेल्ल्या झाडाभाशेन मान खाला

घालप; त्राण वगडावप; गळसणप; कोंचप.

drop (v) पडप; पडूंक दिवप; उडोवप; देंवप; देंवोवप; सोडप; बातील करप; • (n) पडिल्लो थेंब; ओथांबो.

droppings (n) वयल्यान खाला पडटा तें; शेवणीं वा कांय जनावरांची मूर; गोरवांचें शेण, लूत बी; □ मेणबातीचे गळपी थेंब.

drought (n) दुकळ; सुको.

drove (n) गोरवां, मेंढरांचो भोंवतो हिंड; □ हालती गर्दी; • **drover** (n) गोरवांचो व्यापारी; राखणो.

drown (v) उदकांत बुडोवप; बुडून मरप; बुडोवन मारप; □ व्हांवत वचप; □ वडल्ल्या बोवाळांत लहान आवाज बुडप.

drowse (v) झेम येवप; पाती, दोळे लागप; • **drowsy** (adj) निदसुरो; झेमेवपी.

drub (v) दाड्यान कुमकप; पेटप; बडोवप; सडीक मारप; नाका-पुरो करप.

drudge (v) उण्या दिमवड्याचेर मगर वावरप; घाण्या-बैल जावप.

drug (n) वखद; घुंवळे-वखद; • □ घुंवळे वखदाची बींद लागप; • **druggist** (n) वखदा विकपी मनीस; दुकान.

drum (n) (घो) ड्रम; तासो; मुडदग; घोल; □ बल्ल; • **drumstick** (n) मसकासांग.

drunkard (n) बेबदो; बेबदड; सुगंटो.

dry (adj) मको; भिजूक नाशिल्लो; जीव नाशिल्लो; तानेल्लो; • (v) सुकप; मुकोवप; वाळगप.

dual (adj) दोन भागांचें, वांट्यांचें; दुपेट; दोटटी.

dub (v) (घो) फिल्म डब करप; फिल्म तेंच, पूण भास बदलप; □ (मनशाक बी) अडेनांव दवरप.

dubious (adj) खरेपण लागना अशी (करणी); पातयेवं नज असो; अस्पश्ट; जाच्या परिणामाविशीं खात्री दिवं नज असो.

duck (n) बकें; हांयस; □ बुडकी; □ (क्रिकेटींत) शून्य धांवड्यो; • (v) (उदकांत) बुडकी मारप; बुडोवप; □ (मार चुकोवंक) झट करून तकली वागोवप.

duct (n) चर; खळी; व्हाळी; □ शीर (रगताची).

dud (n) शेतांतलें बावलें; कावलाक आयिल्लो मनीस वा वस्त; □ खोटें नाणें; पोको बॉमगुळी; • (adj) नकली; बनावट; फुक्याचो; अर्थ नाशिल्लो; (चेक) जो वटना असो; खोटो.

due (n) येणें; देणें; योग्य वाटो; • (adj) रिणांत आशिल्लो; येणी वा देणी (रक्कम); • (adv) तशेंच; मेतं; फावो ते भाशेन.

duel (n) दोगामदली वादावादी; दोगांमदलें झूज; दोगांभितल्ली सर्त.

duet (n) दोगांनी गायिल्लें गीत; युगलगान.

duffer (n) अक्कल नाशिल्लो; बॉंडो; जाका कांय कळना असो.

dug-out (n) चर; नेम; फोंड; □ रूख कोरांतून केल्लो पनेळ.

dulcet (adj) गोड आनी मधूर (आवाज).

dull (adj) मद; उबगणो; उमेद नाशिल्लो; झेमो; □ विटको; □ जिची धार गेल्या अशी (सुरी).

dumb (adj) मुमखो; मोनो; • **dumbfound** (v) भिवेवन गुळी जावप; वाचा बसप; चकामूर जावप; □ भेज्ञटावप.

dummy (n) तशाक तसो मनीस वा वस्त; सोंवेचें बावलें; नांवापुरतो दवरलेलो मनीस; नकली मनीस वा वस्त.

dump (n) कोयराची राम; ढीग; • (v) राशीर मारप; थो करून उडोवप.

dumpy (adj) गिड्डो आनी मोटो; गाड्गुलांव.

dun (adj) काळसो म्हेळो (रंग); अंधूक; अस्पश्ट; तीनसांजचे कातरेचो; • **(v)** (देणेकाऱ्याचे) फाटीक लागप.

dunce (adj) शिकूंक फाटसार; तकलेन मंद.

dune (n) रेंवेची रास; रेंवेची दोंगुल्ली.

dung (n) शेण, लीद बी; □ सारें; • **dunghill (n)** शेणाची रास; उश्टेवारो.

dungarees (n) जड्डें सुती लुगट; असल्या लुगटाचो भेस.

dungeon (n) काळखी भुंयारी बंदखण; अंधारखण.

dunk (v) बुडोवप; च्या, काफयेंत, दुदांत पावा कुडको बी बुडोवप.

dupe (n) फटवल्लो मनीस; सादोभोळो मनीस; • **(v)** फटोवप; घात करप; नश्ट्या कामापासत दुसऱ्याचो उपेग करप; • **duper (n)** ठक; भामटो.

duplex (adj) दोट्टी; दोन कुशींचो; तळमजलो आनी वयलो मजलो अशें (एक घर).

duplicate (n) प्रतीरूप; तशातशी वस्त; • **(v)** तशातशी दुसरी वस्त तयार करप; • **duplicator (n)** तशातशो बरपाच्यो प्रती काडपाचें यंत्र.

duplicity (n) फटींगपण; कपट; घात; दोट्टी वागणूक.

durable (adj) तगपी.

duration (n) कसल्याय जिनसाचो तगपाचो काळ; मनशाच्या जिविताचो काळ; तग; • **durability (n)** तगसाण; घटसाण.

duress (n) कायद्याभायर बळाचो वापर; जबरदस्ती; बंदिवास.

during (prep) काळांत; मजगतीं; मेरेन.

dusk (n) धुल्ल; पिठो; चुरो; □ आमोरेचो वेळ; तिनसांज.

dustbin (n) कोयराचें आयदन.

duster (n) (घो) डस्टर; धुल्ल फापुडपाची वस्त; फळो पुसपाची वस्त.

duty (n) लागणूक; कर्तव्य; □ काम; कार्य; वावर; □ मानडबी; सरकारी कर, पटी बी; • **dutiable (adj)** सरकारी कर जाचेर भरूंक जाय असो; • **dutiful (adj)** कर्तव्यदक्ष; लागणूक पाळपी.

dwarf (adj) गिड्डो; गांजुट्टो; एदोसो.

dwell (v) रावतिका करप; वसती करप; • **dwelling (n)** घर; मठी; रावतिका; वसतेचें ठिकाण.

dwindle (v) बावप; खिन्नटप; बारीक जावप; आंवळून येवप.

dye (n) रंग; वर्ण; रंगाचें सायित्य; • **(v)** लुगट रंगोवप; • **dyer (n)** रंगारी; रंग काडपी.

dying (adj) मरणाचे धडेक तेंकिल्लो; मरणासन्न.

dyke (n) बांद; चर; खारीज; पाट; □ मेर.

dynamic (adj) रसणायेचो; चैतन्य आशिल्लो; सळसळट्या रगताचो.

dynamite (n) (घो) डायनामायट; तळपां, खडपां फोडपाचीं स्फोटकां; सुरींग.

dynamo (n) बिजली उत्पन्न करपी यंत्र; □ आंतरीक बळ.

dynasty (n) वंश; राजवंश.

dysentery (n) मोडशी; आंव; परसाकडेंतल्यान रगत वचप.

dyspepsia (n) अजिन्न; अपचन; • **dyspeptic (adj)** जाका जिरवण जायना असो.

E e

E e रोमी अक्षरमाळेचें पांचवें अक्षर.

each (adj) जण एक; दर एक.

eager (adj) जाका ताकतीक लागल्या असो; उत्सूक; उतावेळ; □ थार नाशिल्लो; • **eagerness (n)** ताकतीक; उमळशीक; उत्सुकताय; पोटतिडक.

eagle (n) गरूड; घोण.

ear (n) कान; □ कणशी; • **earache (n)** कानाचें उसळप, फोडप; • **ear-drum (n)** कानाचो पड्डो; • **earpick (n)** कानुले; • **ear-ring (n)** पेनेत; कानातलें; • **big ear-ring (n)** वेंकळ; • **earmark (n)** गोरवाच्या कानार वळखुपापामत केल्ली खूण; □ वळखीचो कुरू; • **(v)** एकादऱ्या कामापासत पयशे धारावप; • **earshot (n)** उल्यावयलें अंतर.

early (adv) कळाव करिनासतना; बेगीन; बेगसार; मडमडीत; धार्गायिल्ल्या वेळाचे सुर्वेक; • **(adj)** आदलो; सुर्वेचो; पोरणो.

earn (v) (पयशे, तुस्त-तोखणाय, नामना वी) जोडप; मेळोवप; • **earner (n)** जोडकार; • **earnings (n)** जोड; जोडिल्लो दुडू; उत्पन्न; कमाय; येणावळ; आदाव.

earnest (adj) प्रामाणिक; मनसुर्वेचो; पोटतिडकीचो; गंभीर.

earth (n) धर्तरी; धरणी; पृथ्वी; भूंय; माती; • **earthenware (n)** भाजिल्लें मातयेचीं आयदनां; • **earthquake (n)** भूकंप; भुंयकांप; धरणीकांप; • **earthworm (n)** गांयढोळ.

ease (n) सस्तताय; विसव; सुशेग; सोपेपण; धंडाय; धाकाय; • **(v)** सू जावप; शांत जावप, करप; थंडावप; • **ease oneself (v)** पोट सू करप; हागप; मुतप.

easel (n) (फळो वा फासकी दवरूंक केल्लो) लाकडाचो घोडो; तिकटें.

east (n) उदेंत; पूर्व.

Easter (n) जेजूच्या पुनर्जन्माची परब; पास्कां.

easy (adj) सोपें; सस्ततायेचें; हुस्त्याविरयतचें; • **easy chair (n)** ओल्तेर.

eat (v) खावप; जेवप; □ नश्ट करप; सतावप; • **eatables (n)** खावपाचे जिनस; खावंक.

eaves (n) पांखें; कडाशी.

eavesdrop (v) (लोक उलयतात तें) चोरयां आयकप.

ebb, ebb tide (n) सुकती; देंवतें पाणी; भांग; भाटी; • **low ebb (n)**

देंवती कळा; • **ebb (v)** उदक फाटी सरप; उणें जायत वचप.

ebony (n) काळ्या साराचें एक घट लाकूड; आबनूस; • **ebullient (adj)** उचांबळ; खतखतपी; सळसळपी; अती उमेदी; उतउतो; • **ebbullition (n)** खतखतो.

eccentric (adj) कोल्ली; विचित्र; विक्षिप्त.

ecclesiastic (n) पुरयत; पाद्री; इगर्जेचो अधिकारी.

echo (n) गाज; प्रतिध्वनी; • **(v)** आवाज गाजप.

eclectic (adj) ठांयठांयच्या मतांतल्यान जाय तें घेवपी.

eclipse (n) गिराण; गिरास; • **(v)** गिरासप; दुसऱ्याचेर काळोख वा सावट घालप; व्हडविकेक बादा येवप, हाडप.

ecology (n) जीवसृश्ट आनी भोंवतडीचो अभ्यास; परिस्थितीविज्ञान.

economics (n) अर्थशास्त्र; आस्पतशास्त्र.

economy (n) काटकसर; खर्च उणो करप; □ अर्थवेवस्था; • **economic depression (n)** आर्थिक मंदी; • **economic policy (n)** अर्थनिती.

ecstasy (n) आनंदाची, सुखाची परिसीमा, तेंगशी; सुखाचो उत्कट बिंदू, परम खीण.

eczema (n) कातीचो रोग; चरतें, खरोज बी.

edacious (adj) अधाशी; आशेभगत; आशाधोशी; व्हेंवटो.

eddy (n) उदकाचो भोंवरो; वाटोळी.

edge (n) कड; देग; मेर; □ पात्याची, सुऱ्येची धार.

edible (adj) खावपाक योग्य; • **edibles (n)** खावपाचे जिनस.

edict (n) सरकारी आदेश; फर्मान; हुकूम; आज्ञा.

edifice (n) भवन; भव्य बांदावळ; इमारत.

edify (v) देख दिवप; (शिकोवन) वयर काडप; व्हडविकेक पावोवप.

edit (v) बरपाचें, वर्तमानपत्राचें, नेमाळ्याचें संपादन करप; बरपावळ छापचेपासत संस्कारीत करप; • **editing (n)** संपादन, संकलन; • **edition (n)** आवृत्ती; संस्करण; परतून छापिल्ल्यो प्रती.

educate (v) शिकोवप; शिकोवन बुदवंत करप; मनशाचो विकास करप; • **education (n)** शिक्षण; शिकप; बुद्दीचो विकास.

educe (v) भायर काडप; काडून घेवप.

eel (n) सोरपाचे आकृतायेचें एक नुस्तें.

eerie/eery (adj) (कुड्ड्या भावार्थाक लागून) भिजूड, कांचवेल्लो; □ भेश्टायणो.

efface (v) पुसप; बरयल्लें पुसप; घांसून उडोवप; सोंपोवप; विसरप.

effect (n) परिणाम; फळ; पानवळ; गूण; • **(v)** उत्पन्न करप; पुराय करप; सरतेक व्हरप; • **effects (n)** सामान; आस्पत; म्हालवज; • **effective (adj)** परिणाम जायसारको; कार्यकारी; गुणदिणो; फळादीक; □ लागू.

effeminate (adj) बायजण; मुंडो.

effervesce (v) (उदकाक बी) बोमाडे येवप; फेण येवप; फसफसप; बुडबुडे येवप; □ खोशयेन खळखळप.

effete (adj) जिरजिरीत; जीर्ण; कावलाक आयिल्लो; उपकरना असलो.

efficacious (adj) गूण दिवपी; गुणाक पडपी; प्रभावी; फळदिणो; • **efficacy (n)** प्रभाव; गूण दिवपाची तांक.

efficient (adj) कर्तुत्वी; काम बेस बरें

करपी; कुशळ; • **efficiency (n)** कार्यक्षमता; कर्तृत्वशक्त.

effigy (n) पुतळो; प्रतिमा; चित्र; बावलें.

effluent (adj) उप्पट भरिल्ल्यान भायर ओतपी; • **(n)** कारखान्याचें इबाडिल्लें उदक बी.

efflux (n) उदकाची धार; झोत.

effort (n) प्रयत्न; प्रयास; वावर; तकालस; कश्ट.

effrontery (n) मस्तेपण; अत्रवीदपण; उर्मटाय.

effusion (n) उमाळो; ओग; □ ओतो; वारोवणी; • **effusive (adj)** सभावान सदळ; गळगळीत; मनमेकळो.

egg (n) कोंबयेचें तातीं; कसलेंय तातीं.

ego (n) हावपण; हतम; अहंकार; बडवचार; बीर्य; • **egoism (n)** अहकारी वृत्ती; स्वहितवाद.

egress (n) भायर सरप; निगंमन; भायर वचपाची वाट.

egret (n) बकें; बळार; एक धवो पक्षी.

either (pron) (दोगातलो) हो वा तो; • **(adj)** (दोगातलो) एकलो; • **(adv)** लेगीत; • **(conj)** एक तर.

ejaculate (v) अचकीत किळांचप; उद्गारप; □ शिळकी सोडप.

eject (v) काडून भायर मारप; बळान भायर मोखप; धांवडावप; आमडप.

eke out (v) वड काळ तगचें, चलचें म्हण इल्लीं इल्ली भर घालप; वाडोवप; जुळोवन घेवप.

elaborate (adj) जतनायेन, कश्टान तयार केल्लो; जीव ओतून केल्लो; खयच उणो पडना असो; जथापथ; □ गटखळ; जायत्या विंगड-विंगड साद्याचो; • **(v)** फोडणिशी करप; विसकावन सांगप.

elapse (v) वेळ काळ वचप, सरप; कळाव जावप.

elastic (adj) लवको; लवचीक; ताणलो तरी मूळ पदार येवपी; परिस्थितीकडेन जुळोवन घेवपी; □ उमेदी; • **(n)** रबराचें फीत वा दोरी (जी ताणले उपरांत लांब जावन परत मूळ पदार येता).

elate (v) धादोशी जावप, करप; व्हडवीक दिवप; येसान फुगप; • **elation (n)** येसान आयिल्लो अभिमान, गर्व.

elbow (n) कोपर.

elder (adj) जाणटो; व्हडलो; शाणो; अणभवी; • **(n)** म्हालगडो.

elect (v) (मतां दिवन) वेंचून काडप; (प्रतिनिधी) वेंचप; • **election (n)** वेंचणूक; निवडणूक; • **electorate (n)** वेंचणूक मांडाचे मतदार.

electricity (n) वीज; बिजली; • **electrician (n)** वीजतंत्री.

electrocute (v) विजेचो धक्को बसून मरप; विजेचो धक्को दिवन (गुन्यावगाराक) मारप.

electron (n) इलेक्ट्रोन; अणूचो रेणू; परमाणू; • **electronics (n)** परमाणू शास्त्र.

elegance (n) कांत; सोबिताय; सरुपाय.

elegy (n) शोकगीत; मेल्ल्याचेर दुखव परगटावपाचें गीत.

element (n) वांटो; भाग; घटक; मूळतत्व; □ सभावीक वातावरण; • **elementary (adj)** आरंभाचो; सुर्वेचो; मुळावो; सुरवात करतल्याचो.

elephant (n) हती.

elevate (v) उखलप; उबारप; ऊंच काडप; वयर काडप; व्हडविकेक पावोवप; • **elevated (adj)** ऊंचायेर काडिल्लो; व्हडविकेचो; थोर; ऊंचल्या पावड्याचो; • **elevator (n)** (घो) लिफ्ट; उखलणें;

• **elevation (n)** उंचाट; दर्शनी रुपकार; फुडो.

eleventh hour (n) ऐन वेळ.

elf (n) परी; देवदूत; □ अवजाळी; आडांगी भुरगें.

elicit (v) उजवाडा हाडप; (प्रस्नाची जाप) मेळोवप; (सार) भायर काडप.

elide (v) (स्वर वा अक्षर) गाळप (देखीक he's).

eligible (adj) फावोसो; योग्य; वेंचून काडपासारको; लग्नाक पात्र.

eliminate (v) कडसरावप; काडून उडोवप; भायर घालप; पयसावप; ना करप.

elite (n) (लोकांतलो) ऊंचलो वर्ग; वेंचीक पंगड; शिश्ट लोक; • **(adj)** बेस बरो; सगल्यांत बरो.

elixir (n) उणाक धातूचें भांगरांत रुपांतर करपी रसायण (कल्पित); परीस; □ रामबाण उपाय.

elk (n) जाच्या शिंगांक फागूर आसतात अशें व्हड मेरू.

ellipse (n) दीर्ग वर्तूळ; तांतयांचे आकृतायेचें वर्तूळ.

elm (n) खरवती पानांचो रूख.

elocution (n) बसकेंत, सभेंत भाशण दिवपाची कला; भाशण कसब; वक्तृत्व.

elongate (v) लांब जावप, करप; लांबोवप; वाडोवप; दिर्गावप.

elope (v) मोग्यांनी सांगातान गुमानीत पळून वचप (लग्नापासत).

eloquent (adj) उलोवंक कसबी, सुंदरभाशी.

elucidate (v) फोडणिशी करून सांगप; समजावप; प्रस्नाचेर उजवाड घालप.

elude (v) संकश्टाचे परिस्थितींतल्यान चकोवन पळून वचप; हातांतलो सुटप; पपा काडप; □ कायद्याक फटोवप; □ गोंदळांत घालप; • **elusive (adj)** चकोवपी; सांपडूंक कठीण.

Elysium (n) (ग्रीक पुराणाप्रमाण) मोक्ष; सर्ग; नंदनवन.

emaciated (adj) हाडयो; हाडकुटो; बडक; सुकतडो लागिल्लो; भुकेन वा पिडेन बारीक जाल्लो.

emanate (v) (खंयच्यान, कित्यांतल्यान) भायर सरप; उपजप; निर्माण जावप.

emancipate (v) (बंधनांतल्यान) मेकळो करप, जावप; स्वतंत्र करप; उद्धार करप.

embalm (v) वासाचें तेल लावप; बाम लावप; परमळावप; नश्ट जावपापासून रसायण लावन वांचोवप; प्रेत कुसचें न्हय म्हण रसायण लावप, घालप.

embankment (n) न्हंयेकुशीक बांदून काडिल्ली धड; पाज्ज.

embargo (n) व्यापार बंदी; तारवांक येवंक-वचूंक बंदी; आडावण.

embark (v) तारवार चडोवप, चडप; □ आरंभ करप.

embarrass (v) सतावप; तिडावप; नाका-पुरो करप; दुडवांचे अडचणींत घालप; • **embarrassment (n)** बादा; बंदी; अडचण; झंझट; □ लज; कांच; कटकट; सतावणी.

embassy (n) परदेशांतलो राजदुतावास; रायबाऱ्याची कचेरी.

embed (v) कोंतरावन घालप.

embellish (v) नेटोवप; सजगोवप; शृंगारप; वस्ती बी घालून सुंदर करप.

embers (n) इंगळे; निखारे.

embezzle (v) सांबाळूंक विस्वासान दिल्लो दुडू आपल्या कामाक वापरप.

embitter (v) दुखोवप; तिडावप; राग हाडप; कोडू करप;

• **embittered (adj)** दुखवल्लो; कोडु जाल्लो; त्रासिल्लो.

emblem (n) निशाणी; प्रतीक; बोध; चित्र; खूण.

embody (v) आकार दिवप; आसपावप; आसपावन घेवप; एकवटप; एकठावप.

emboss (v) चित्राक वा अक्षराक उबारी दिवप (फाटल्यान घेपून); • **embossing (n)** उठावचित्र.

embrace (v) कॅग मारप; वॅगावप; खेंव दिवप; गोपांत घेवप; पोटलावप.

embroider (v) नक्षी करप; कंगरखीस करप; • **embroidery (n)** भरतकाम.

embroil (v) झगडे लावप; घुसपागोंदळ करप.

embryo (n) गर्भ; गाब.

emend (v) चुको काडून निवळावप; सुधारप.

emerald (n) पाच; माणिक.

emerge (v) उकताडा येवप; उगडपें जावप; उदेवप; परगटप; (उदकांतल्यान बी) वयर सरप; • **emergent (adj)** भायर येवपी; उदयाक येवपी (राष्ट्र).

emergency (n) आकांताचो वेळ; आपतकाळ; आणिबाणी.

emeritus (adj) (सेवामुक्ती उपरांत) भोवमानाचें स्थान जाका दिलां असो.

emersion (n) भायर सरप; मुखार येवप; गिरणा उपरांत सूर्याचें, चंदाचें परतून दिसप.

emetic (n) ओंकारे हाडपाचें वखद.

emigrate (v) आपलो देस सोडून परदेसांत राबितो करप; देसाभायर रावंक वचप.

eminent (adj) नामनेचो; नांवलोकिकाचो; फांकीवंत; व्हडविकेक पाविल्लो; थोर.

emissary (n) दूत; सांगणेकार; खाशेल्या कामार धाडिल्लो मनीस.

emission (n) (उजवाड, धुंवर वी) भायर सोडप; भायर सोडिल्लो पदार्थ; लोट; झोत; □ मारिल्ली किळांच.

emolument (n) वावराचो दुडु; दिसवडो; पगार; बिदागी.

emotion (n) भावना; मनोभाव; मोवळाय; वड; • **emotional (adj)** भावनावश; गळगळो; आकुळ-पिकुळ.

empanel (v) वळेंत नांव घालप.

emperor (n) सम्राट; पात्शाय; म्हाराज; महाराजा; • **empress (n)** सम्राज्ञी; महाराणी.

emphasis (n) उतराचेर वा वाक्याचेर उलयतना वा बरयतना घाल्लो भार; भर.

empirical (adj) (शास्त्र लक्षांत घेनासतना) प्रयोगाचेर आधारलेल्लो; अणभवान थारायल्लो (देखीक : गांवठी वैद्य).

emplane (v) विमानांत चडप, चडोवप.

employ (v) वापर करप; उपेगांत हाडप; नोकरेक दवरप; • **employee (n)** नोकर व्यक्ती; • **employer (n)** नोकरेक दवरपी धनी, मालक; • **employment (n)** नोकरी; वेवसाय; व्यापार-उद्देग; उपेग; • **employment exchange (n)** नोकरेपासत नांव दिवपाचें सरकारी खातें.

empoison (v) वीख घालप; विखाळ करप; विखारप.

emporium (n) मोटो शोरूम; व्हड दुकान; □ व्यापारी पेठ.

empower (v) अधिकार, सत्ता दिवप.

empty (adj) रिकामो; रितो; पोको; पोलो; □ मेकळो; □ अर्थ नाशिल्लो.

emulate (v) दुसऱ्याइतलेंच वा ताचेपरस बरें करूंक वावरप; अनुकरण करप; पाठ गिरोवप.

emulsion (n) (एकामेकांत विरगळून वचनात अशा पातळ जिनसांची) भरस

(देख : तेल आनी उदक).

enable (v) बळ, तांक दिवप; शक्य करप; अधिकार दिवप.

enact (v) कायदो करप; □ माचयेर सवंग करप; नाटकांत काम करप.

enamel (n) (घो) इनामेल; (सुकलेउपरांत) चकचकपी रंग; कलय कसो एक लेप; □ दांतांवयलें लुकण.

enamoured (adj) मोगांत पडिल्लो; जीव लावन बशिल्लो.

encamp (v) तंबू ठोकप; पेणें करप; थोड्या काळापुरती रावतिका करप.

encase (v) काशींत दवरप; कित्यांतूय धांपप; (भांगराचें) गिलीट काडप.

enchain (v) सांखळेन बांदप; बेडयो घालप.

enchant (v) फुसलावप; भुलोवप; मोहिनी घालप; वश करप; जादू करप; मंत्रमुग्ध करप.

encircle (v) रेवडावप; रेवाडो घालप.

enclave (n) एका राज्याचो दुसऱ्या राज्यांत आशिल्लो प्रदेश.

enclose (v) दुरगाभितर दवरप; रेवाड्यांत दवरप; □ लाखाट्यांत घालप; • **enclosure** (n) रेवडायल्ली सुवात; दुरगाभितल्लो जागो.

encore (v) परत आपोवप; • (int) वन्स मोर! आनीक एक फावट!

encounter (v) भेटप; गाळप; □ आदळप; □ लटाफट करप; • (n) भेट; भेटाभेट; □ आदळणी; □ लटाफट; झूज.

encourage (v) फाटबळ दिवप; फुडें काडप; उमेद हाडप.

encroach (v) दुसऱ्याची सुवात हातासप; दुसऱ्याचो जागो आपलो म्हणप; आडावप; आपलें आसन मांडप; • **encroachment** (n) अतीक्रमण.

encumber (v) आडखळ हाडप; भार जावप; मेकळेपण काडप; • **encumbrance** (n) आडखळ; आडावण; चेपण; भार; जबाबदारी; वजें.

encyclopaedia (n) ज्ञानकोश; विश्वकोश; गिन्यानाचें भांडार.

end (n) शेवट; अंत; समाप्ती; निमणी शीम; • (v) सोंपोवप; • **endless** (adj) अंतहीन; शेवट नाशिल्लो; सासणाचो.

endanger (v) संकश्टांत घालप; घाताक पडप; इपत्तींत सांपडप.

endear (v) आवडप; प्रितीचो जावप; मोगाचो जावप; ओड लावप.

endeavour (v) प्रयत्न करप; वावरप.

endemic (adj) थळावो; • (n) थळावो रोग; पिडा.

endorse (v) निशाणी करून मान्य करप; पास करप; चेकाचेर फाटल्यान मान्यतायेची निशाणी करप.

endow (v) वर्सासनाची वेवस्था करप; वर्साविळीचें उत्पन्न मेळसारकी बंदिस्ती करप.

endure (v) पिरंगनासतना सोंसप; हालउपाद्रे भोगप; □ तगप; • **endurance** (n) सोंसपाची तांक; सोंसणिकाय; • **lose endurance** (v) आवरो उडप; सोंसपाची तांक वगडावप.

enemy (n) दुस्मान; शत्रू.

energetic (adj) उमेदीन वावुरपी; उर्बेवंत; तांक, बळ आशिल्लो; • **energy** (n) बळ; जीव; उर्जा; उमेद; नेट; त्राण; बळगें; घटाय; □ उर्जा.

enervate (v) अशक्त करप; बळ मोडप; खासावीस करप.

enfold (v) वेंगावप; गुठलावप; पोशांत धांपप; घडी करप.

enforce (v) (कायदो) पाळूंक लावप;

लागू करप; बळ लावप; जबरदस्ती करप.

engage (v) उतर दिवप; कबलात करप; □ सोयरीक जावप; साखरपुडो, मुदी जावप; □ चाकर दवरप; नेमप; □ सुवात आडावप; (गाडी) भाड्याक करप; (गजालींनी) आडावन दवरप; □ कामार आसप; □ (दुस्मानाचेर) घुरी घालप; (राजकारणांत) वांटो घेवप; • **engagement** (n) उतर; वचन; □ मेळपाची धारावणी; □ साखरपुडो; सोयरीक; मुदी; □ वावर-धंदो; • **engaging** (adj) ओडलायणो; भुलयणो; चित्त ओडपी; भूल घालपी; सुंदर.

engender (v) उत्पन्न करप; जल्माक हाडप; कारण जावप.

engine (n) (घो) इंजीन; शक्ती निर्मुपी यंत्र.

engineer (n) (घो) इंजिनियर; अभियंतो; • (v) घडोवप; रचप; □ उपाय करप; □ (कारस्थान) रचप.

engrave (v) (धातू, फातर वा लाकूड) कोरतप; कातोवन नक्षी करप; □ (काळजार) कोरांतप.

engross (v) वळडल्या आनी सुंदर अक्षरांनी बरोवप; □ गुल्ल जावप, करप; तनरी लागप.

engulf (v) (उज्यान, भुंयकांपान) गिळप; पोटांत घेवप; गट्ट करप.

enhance (v) वाडोवप; वळड करप; (देखीक : मोबिताय, नांवलोकीक वी वाडोवप).

enigma (n) उमाणें; कुवाडें; गोमनाणें; समजिकायेपेली गजाल.

enjoin (v) फर्मावप; हुकूम सोडप; आज्ञा करप; कायद्यान मना करप.

enjoy (v) खोंस मानप; आनंद घेवप; रूच घेवप; भोगप; □ अणभव घेवप; • **enjoyment** (n) उपभोग; खोस; आनंद; खुशालकाय; मौजमजा; भोग.

enlarge (v) रुंदावप; विस्तारप; वाडोवप; वळड जावप; वाढप.

enlighten (v) एकादऱ्या विशयाचेर उजवाड घालप; समजाविशी करप; समजावप; (विशय) स्पश्ट करप; फोडणिशी करप.

enlist (v) वळेंत नांव बरोवप; भरती करप; सैन्यांत घेवप; फाटबळ मेळोवप.

enliven (v) जीवसाण हाडप; रसणाय हाडप; उमेदी करप.

en masse (adv) जम्यान; सगळ्यांनी मेळून; एकवटान; भौसासयत.

enmesh (v) जाळांत घुसपावप; धरप; आडखळावन दवरप.

enmity (n) दुस्मानकाय; शत्रुत्व; वायटपण; वितुश्ट; खडाश्टक.

enormity (n) चड मोटें प्रमाण; आकाताचो आवाठ; □ भयांकृत क्रूरताय, दुश्टपण; भिरांकूळ गुन्हाव; म्हाभयंकर चूक; • **enormous** (adj) भव्य; खूब वळड; चड मोटो; आकांताचो.

enough (adj) जाय तितलो; फाव तितलो; • (adv) फावो सारको.

enquire, inquire (v) प्रस्न विचारप; खबर घेवप, काडप; चवकशी करप; **enquiry, inquiry** (n) चवकशी; तपासणी; सोद; जायणी.

enrage (v) राग, तिडक हाडप; खुबळावप.

enrapture (v) धादोशी जावप वा करप; सभराभरीत जावप; खोशयेची तनरी लागप; गुल्ल जावप.

enrich (v) गिरेस्त करप; तरताक पावोवप; बळ, मोल, आस्पत वाडोवप.

enrol (v) वळेरेंत नांव बरोवप; भरती

जावप, करप; वांगडी जावप, करप; • **enrolment** (n) नांवनोंदणी.

en route (adv) मार्गार; वाटेर; रस्त्यार.

enshrine (v) देवळांत दवरप वा प्रतिश्ठापना करप; पवित्र सुवातेर स्थापन करप; सुगूर दवरप.

ensign (n) बोटीवयलो बावटो; झेंडो; □ धुडी; खुणा; प्रतीक; नाट.

enslave (v) बंदो करप; गुलामपणांत दवरप; वेटीक लावप.

ensnare (v) जाळांत धरप; कोयणेंत, हिरोवणेंत धरप; □ शेवण्यांक, जनावरांक फटोवन धरप.

ensue (v) फळीत कसो घडप; उद्भवप; • **ensuing** (adj) येवपी; फुडलो; □ फळीत म्हणून घडपी.

ensure (v) खात्री करप, दिवप.

entail (v) परिणाम म्हणून वांट्याक येवप; भार पडप.

entangle (v) कुवाड्यांत घालप; अडचणींत घालप; फटोवप; • **entanglement** (n) घुसपणी; जंवजाळ.

enter (v) भितर सरप; प्रवेश करप; रिगप; वांगडी जावप; (वळेरेंत) बरोवप; (फौजेंत) भरती जावप; □ वांटो घेवप.

enterprise (n) म्हान कार्य; कर्तूब; धिटायेची करणी; अवघड वावर; • **enterprising** (adj) उद्देगी; कपशेचो.

entertain (v) पावणार दिवप; सरबराय करप; रंजवप; मनोरंजन करप; रिजोवप; • **entertainment** (n) करमणूक; मनरिजवणी.

enthral (v) मोहिनी घालप; वश करप; मंत्रमुग्ध करप.

enthrone (v) राज्यार बसोवप; राजा करप.

enthusiasm (n) उमेद; उर्बा; उत्फरके; खोस; • **enthusiastic** (adj) उमेदी; उर्बेवंत.

entice (v) फितोवप; हांयस दाखोवन वश करप; काम करीत मुखार काडप; • **enticement** (n) हांयस; भूल घालपी गजाल.

entire (adj) पुराय; सगलो; सगल्यासगळो; • **entirely** (adv) पुरायेन.

entitle (v) अधिकार दिवप; अधिकारी करप; □ पुस्तकाक नांव दवरप; माथाळो दिवप; □ बिरूद ओंपप.

entity (n) प्रत्यक्षांत आसा ती वस्त वा व्यक्ती; अस्तित्व.

entomb (v) थड्यांत पुरप, निखिपप; समाधिस्त करप.

entomology (n) किड्यांचो अभ्यास; किटाणूशास्त्र; कीटकविज्ञान.

entourage (n) म्हत्वाचे व्यक्ती सांगाताचो परिवार (भोंवडेक बी वतना आसता तो); भोंवतण; □ भुरावळ.

entrails (n) जनावराचो कोठो, आंतकड्यो बी; □ भितल्लो भाग.

entrain (v) रेलगाडयेंत चडप, चडोवप.

entrance (n) भितर सरूंक दार, वाट; रीग; प्रवेश; • (v) खोशयेन वा भयान भारून वचप; भान वगडावपाइतलो खोशी जावप; तनरी लागप; • **entrance fee** (n) प्रवेश फी; • **entrant** (n) भितर सरपी; परिक्षार्थी; नवो वांगडी; उमेदवार.

entrap (v) पांदऱ्यांत धरप; सांपडावप; भुलोवन सांपळ्यांत धरप; अडचणींत धरप.

entreat (v) मागणें करप; प्रार्थना करप; विनोवप; • **entreatingly** (adv) गळवज्ञा येवन; हातापांयां पडून; खालतेपणान.

entrench (v) फौजेन राखणेपासत चरांत

रावप; चर खणप; • **entrenched (adj)** (म्हत्वाचे सुवातेर) थीर राविल्लो; सुगूर जाल्लो; हालोवंक कठीण असो.

entrepreneur (n) धाड्शी व्यापारी वा कारखानदार; जोखीम पत्करपी; □ व्हडल्यो-व्हडल्यो कार्यावळी घडोवन हाडपी कंत्राटदार.

entrust (v) विस्वासान सुवादीन करप; पातयेवप; भावार्थ दवरप.

entry (n) भितर सरपाची वाट; रीग; प्रवेश; □ हिसबापटयेंत केल्ली नॉद; □ माचयेर केल्लो प्रवेश.

entwine (v) गुथप; घुमपावप; (वाली भाशेन) वेंग मारप; वेटाळें घालप.

enumerate (v) मेजप; एक एक नाव घेवन मेजप; गणटी करप; • **enumeration (n)** गणटी; मेजणी.

enunciate (v) स्पश्ट करप; स्पश्ट रुपान मांडप; स्पश्ट उच्चारप; प्रतिज्ञेन सांगप.

envelop (v) गुठलावप; रेवडावप; धांपप.

envelope (n) लाखाटो; फोन्नकाप; लिफाफो; कवर.

enviable (adj) (वाटेपणाक लागून) जाची नसाय दिसची असो; जी मेळची अशी आशा करपासारकी (वस्त); • **envious (adj)** दुस्वासी; कुण्णाटी; मत्सरी; जळपी; • **envy (n)** दुस्वास; नसाय; कुण्णाटकाय; जाळ; • **(v)** दुसऱ्याच्या व्हडपणान पोटांत चाबप; दुस्वास करप.

environment (n) भोंवतड; भोंवतणचो वाटार; पर्यावरण; वातावरण; • **environs (n)** शारा भोंवतणचो वाटार; परिसर.

envisage (v) अदमास, सुमार करप; कल्पप; येवजप; फुडार मतींत हाडप.

envoy (n) राश्ट्राचो खाशेलो दूत, प्रतिनिधी, पडहात; सरकारी संदेश व्हरपी.

enwrap (v) गुठलावप; रेवडावप; वेश्टण घालप.

ephemeral (adj) खिणयाळो; खिणाभराचो; अल्पकाळाचो; एका दिसाचो.

epic (n) महाकाव्य; पराक्रमाची गाथा; वीरकथा; • **(adj)** भव्य; महान; उदात्त.

epicentre (n) मूळ; केंद्र; जयंच्यान उद्भव जालो तें केंद्र; भुंयकांपाचें केंद्र; केंद्रबिंदू.

epicure (adj) भोगी; विलासी; खाणा-जेवणाच्यो रुची बाळगुपी; पियेवपाचे बाबतींत रुचीसंपन्न.

epidemic (n) धाम; वशा-पिडा; वसो; वारें.

epigram (n) न्हानशी चुरचुरीत कविता; धोड्याच उतरांनी वर्णिल्लो खुशाल करून सोडपी प्रसंग.

epigraph (n) शिळालेख; फातरपटो; आदर्शवाक्य.

epilepsy (n) मोडणें; मोडणें मारून येवपा पिडा; मत्लूक; फेंपरें.

epilogue (n) पुस्तकांतलीं वा उलोवपांतलीं निमाणीं उतरां; उपसंहार.

episcopal (adj) बिशपासंबदीत.

episode (n) अध्याय; प्रकरण; □ आडकथा; उपकथा; प्रसंग.

epitaph (n) थड्यावयलें बरप; यादस्तिकावयलें बरप; समाधीलेख.

epitome (n) देख; आटाप; सार; तात्पर्य.

epoch (n) पर्व; यूग; काळ.

equable (adj) धीर; शांत; सम; एकेच तेरेचो; चड उश्ण न्हय, चड थंड न्हय असो (प्रदेश).

equal (adj) समा; सारको; बराबरीचो; फावोसो; • **equality (n)** बराबरी; सारकाय; समता; समानताय.

equanimity (n) मनोशांती; मनाची

थंडसाण; समवृत्ती.

equate (v) बराबर मानप; सारको लेखप; सर करप.

equation (n) समीकरण; संतुलन; सारकाय.

equator (n) भूमध्यरेखा; विषुववृत्त.

equiangular (adj) समकोनी.

equidistant (adj) अंतरान बराबर, समांतर; सारक्याच अंतरार आशिल्ले.

equilateral (adj) सगल्या आंगांनी सारको; समहाती; तिनूय कडो समान आशिल्लो (त्रिकोन).

equilibrium (n) संतुळा; समतोल; (न्याय करतना) पक्षपातविरयतची वृत्ती.

equine (adj) घोड्यासंबंदीत.

equinox (n) दीस आनी रातीची लांबाय सारकी आसता ते दीस वा काळ (अदमास २० वा २१ मार्च आनी २२ वा २३ सप्टेंबर); विषुवकाळ.

equip (v) (आयुदां, आवतां आनी म्हायती दिवन) तयारी करप; सज्ज दवरप; • **equipment (n)** सामान; सामुग्री; आयुदां; आवतां; तयारी; सिद्धताय.

equitable (adj) उजू; नितीचें; न्यायाचें; सारकें; योग्य.

equity (n) उजूपण; सारकाय; न्याय; नीत; □ लिमिटेड कंपनीचें भाग-भांडवल.

equivalent (adj) (गुणान; दरान) बराबरीचो; सारको; समतुल्य.

equivocal (adj) दुबावाचो; पातयेवं नज असलो; संदिग्ध.

era (n) म्हत्वाचे घडणेसावन सुरू जावपी काळ; पर्व; यूग; कल्प; सन; संवत.

eradiate (v) चकचकप; उजवाडाचीं किरणां फांकारप.

eradicate (v) मुळासावन ना करप (पिडा, रोग); नानपश्चात करप; सोंपोवप; • **eradication (n)** निर्मुलन.

erase (v) पुसप; बरयल्लें रबरान बी पुसप; खरवडून काडप, उडोवप; • **eraser (n)** बरयल्लें पुसपाचो रबर.

erect (adj) उबार; उबो; नीट; सरळ; तायट; • **(v)** उबारप; घडोवप.

eremite (n) आश्रमवासी; संन्यासी; वानप्रस्थी; रानांत रावपी.

erode (v) झरप; सोंपोवप; (दर्यान जमीन) प्रक्रियेन खावन उडोवप; इबाडून वचप.

erotic (adj) मोगासंबंदीत; शृंगारीक.

err (v) चुकप; चूक घडप, करप; पातक घडप, करप; • **error (n)** चूक; भूल; • **erroneous (adj)** चुकीचो; बरोबर न्हय असो.

errand (n) निरोप वा सांगणी पावोवंक केल्ली भोंवडी; कामापासत फावट.

errant (adj) आडमार्गी; तवनास; पारपोळ; • दयाळ करण्यो करूंक भोंवपी.

erratic (adj) ताळमेळ नाशिल्लो; रीतरविशेभायरो; अचकीत येवपी, वचपी; नेम लागनाशिल्लो; आडोळो.

erratum (n) बरयतना वा छापतना केल्ली चूक; • **errata (n)** चुको; शुद्धीपत्र.

error (n) चूक; घाळपण.

eruct, eructate (v) धेंकर येवप, दिवप.

erudite (adj) गिन्यानी; पंडित; विद्वान.

erupt (v) फुटून भायर सरप (दांत; ज्वालामुखी); • **eruption (n)** फुटणी; फुटाणें; □ पुळेर; मुंबरां; कात फुटप.

escalator (n) (घो) इसकेलेटर; घोळटीं सपणां, इस्काद.

escapade (n) अती धाडशी करणी; नेम मोडपाची धाडशी कृती.

escape (v) कूस मारप; चुकोवप; टाळप; पळून वचप; • **(n)** सुटका; पपा; □ निस्तर; निभाव; • **escapist (adj)**

पलायनवादी; जापसालदारकी टाळपी; प्रसंगावेळार पळपी.

eschew (v) (जें वायट अशें मानता) तें टाळप; पयस रावप (देखीक : हिंसेपासून).

escort (n) सांगाती; वांगडी; राखण दिवपी; • (v) सांगात दिवप; राखणेक रावप.

escritoire (n) खण आशिल्लें (गवेतांचें) बरोवचेलें मेज; वाचपाची बरोवपाची कुड.

escudo (n) (धो) इश्कूद; पुर्तुगीज चलन.

esoteric (adj) गूढ; जे जाणात वा जांणी गिन्यान मेळयलां तांकांच समजुचेलो.

especial (adj) चालंत नव्य असो; बेस बरो; खाशेलो; खेरीत; असाधारण.

espionage (n) दुसऱ्या राष्ट्राची खुजातयेची बी चोरून खबर काडप; हेरगिरी.

espouse (v) लग्न जावप; □ (कसल्याय वावराक) फाटबळ दिवप; वावराकडेन लग्नीक जावप; वावर आपलो मानप.

espy (v) पयसुल्यान नदर दवरप; पत्तो लावप; सांपडावप.

essay (n) निबद; खाशेल्या विशयाचेर केल्लें बरप; □ प्रयत्न; येसाय; • **essayist** (n) निबंदकार.

essence (n) अगळ; अर्क; सार; आपरोस; □ परमळ. • **essential** (adj) सारचो; म्हत्वाचो; गरजेचो; करूकच जाय असो.

establish (v) स्थापन करप; चालू करप; प्रमाणीत करप; सिद्ध करप; • **establishment** (n) मांडावळ; ठायबसका; सघटणा; दुकान; वेव्हारचें ठिकाण; □ घरसंवसार.

estate (n) इस्टेट; भाट-बेस; ठिकाण; आस्पत; म्हालवज; संपत्ती; दौलत.

esteem (n) भोवमान; अपुर्बाय; कौतूक; तोखणाय.

estimate (v) सुमार, अदमास करप; तर्जप; अंदाजप; बारप; मोलावप.

estranged (adj) पयसावल्लो; वेगळावल्लो; परकी जाल्लो.

estuary (n) न्हंयचें रुंद मूख.

et cetera (n) हे आनी हेर; अशेच तरेचे हेर.

etch (v) पत्र्याचेर कोरांतून छाप करप.

eternal (adj) शाश्वत; सासणाचो; आदी-अंत नाशिल्लो; • **eternity** (n) सासण; जाका अंत ना असो.

ether (n) कुपांवयलें निवळ मळब; □ भूल; गुंगी दिवपाचो गॅस.

ethereal (adj) न्हवपीक; हवेभाशेन; (दिसूंक) नाजूक; दिव्य; परीभाशेन.

ethics (n) नीतशास्त्र; आचार-तत्वां.

ethnic (adj) मनीस-कुळये संबंदीत; मानव-वंशाविशीं; • **ethnology** (n) मानव वंशाचो अभ्यास.

ethos (n) लोकाचार; मनीस-सभाव वा प्रकृती.

etiquette (n) शिश्टाचार; दस्तूर; चार-चौगांत वागचेली रीत-रवीस.

etymology (n) उतरावळ-शास्त्र; उतरांचो अभ्यास; इतिहास; व्युत्पत्ती.

eucalyptus (n) निलगिरीचें झाड (निलगिरी तेल दिवपी).

eulogize (v) वाखाणप; तुस्त-तोखणाय करप; गूण गावप; • **eulogy** (n) वाखाणणी; तुस्त-तोखणाय; गुणगायन.

euphemism (n) वायट गजाल सांगतना मोवाळ उतरांचो वापर (मेलो = भायर पडलो).

euphoria (n) सुखाचो भास.

euthanasia (n) इत्सामरण; हालउपाद्यांतल्यान सुटूंक आपखोशयेन पत्करलेलें मरण; शांत मरण.

evacuate (v) जागो रितो करप; सुवात सोडप; रावता थंयच्यान भायर सरप; □ रकोवप; कोठो साफ करप; • **evacuee (n)** निर्वासीत; रावचो जागो सोडून जाका वचचें पडटा तो.

evade (v) टाळप; चुकोवप; पळून वचप; कूस मारप; • **evasion (n)** चुकोवप; टाळप.

evaluate (v) पांवडो, मोल थारावप; गूण तर्जप.

evanescent (adj) खीणभर दिसून अदृश्य जावपी.

evangelist (n) (क्रिस्ती) धर्मप्रचारक; शुभ वर्तमान पातळावपी.

evaporate (v) पातळ पदार्थाची ऊब, वाफ जावप वा करप.

eve (n) सांज; सांजवेळ; □ आदलो वेळ; आदलो दीस; □ सुरवात; आरंभ; • **evening (n)** सांजवेळ; दीस पडपा आदलो वेळ; • **late evening (n)** तीनकातरे-वेळ.

even (adj) सपाट; एका तळाचो; सुळसुळीत; टुळटुळीत; □ शांत; □ फाड्याचो (आंकडो); • **(adv)** लेगीत; सावन.

event (n) प्रसंग; घडणी; घडणूक; गजाल; कार्यावळ; • **eventful (adj)** म्हत्वाच्या घडण्यांनी, प्रसंगांनी भरिल्लो; म्हत्वाच्या घडण्यांचो.

eventual (adj) निमाणो; शेवटाचो; फळीत कसो घडिल्लो.

ever (adv) सद्दां; केन्नाय; खंयच्याय वेळार.

evergreen (adj) सदांच पाचवो; सदांच उमेदी; रसरशीत; तरणाटो; □ पानां गळनात असलो रूख.

everlasting (adj) सासणाचो; अज्रंवर; सदांकाळ उरपाचो.

every (adj) प्रत्येक; जणेक; दर एकलो; • **every now and then (adv)** उतरापावलाक; • **everywhere (adv)** सगल्याक; सगलेकडेन.

evict (v) घरांतलो धांवडावप; कायद्याच्या बळार घराभायर काडप.

evidence (n) गवाय; प्रमाण; साक्षी-पुरावो.

evident (adj) उकतें तशें स्पश्ट; जाचे फोडणिशेची गरज ना अशें.

evil (n) वायट काम; नश्ट; पातक; □ संकश्ट; दुखख; • **(adj)** नश्टो (हेतू); दुश्ट (करणी).

evince (v) (उमळशीक, उत्सुकताय) परगटावप; व्यक्त करप; दाखोवप.

evoke (v) होरावप; जागोवप; आपोवप; □ ध्यानांत हाडप.

evolution (n) सवकासायेन जाल्ली उदरगत; जयपत; वाड; वाडावळ; उत्क्रांती.

evolve (v) सैमीक वाड, उदरगत जावप; सुधारत वचप; आपापूण विकसीत जायत वचप; □ मांडावळ तयार करप, घडप; □ उकतो जावप; रुपांतर जावप.

ewer (n) कान आशिल्लें उदकाचें आयदन; जग.

ex (prefix) आदलो; • **(prep)** -तल्यान.

exacerbate (v) जडावप; जडार घालप; (संबंदांची) कोडसाण वाडोवप.

exact (adj) जिंत्रूप; अचूक; बराबर; जिस्ताजिस्त; तशातसो; □ चुकचोना अशी जतनाय घेवपी; • **(v)** जबरदस्तीन वसूल करप; जबरदस्तीन (पयशे) घेवप.

exaggerate (v) अतिताय करप; घडलां ताचेपरस फुगोवन सांगप (वेंतभर शेंवटो हातभर गाबोळी).

exalt (v) वाखाणप; तुस्त करप; तोखेवप;

• **exalted (adj)** ऊंच पांवड्यावयलो; उदात्त; उज्.

examination (n) परिक्षा; तपामणी; आलोचन; • **examine (v)** परिक्षा घेवप, करप; तपास, चवकशी करप; पारखप; □ कोर्टांत तपासणी करप, प्रस्न करप.

example (n) देख; नाट; नमुनो; आदर्श.

exasperate (v) तिडक हाडप; चाळोवन घालप; खुबळावप.

excavate (v) खणप; जमीन (पोरणावळ सोदूंक बी) उस्तप.

exceed (v) (जाय ताचेपरस वा आमूंक फावता ताचेपरस) वाडप; चडप; शीम हुपप; (गुणानी) आसा ताचेपरस चड जावप; (गती) आसा ताचे परस चड वाडोवप बी.

excellence (n) सुलाखीपण; अपरुपाय; थोराय; अत्योत्तमपण.

excellency (adj) भोवमानादीक (राष्ट्रपतीजी).

except (v) कडमरावप; कडाळप; वगळप; • **(prep)** खेरीज, बगर; • **exception (n)** आडवाद; अपवाद; चालताभायली गजाल; • **exceptional (adj)** अपरूप; आगळो; आथवो; असामान्य; चालता भायलो; अजापाचो.

excerpt (n) (पुस्तकांतलो वा उलोवपांतलो) वांटो; भाग.

excess (n) गरजेपरस चड; चडावत; अती; अवांतर.

exchange (v) अदलाबदल करप; (दुडू) वाटावप; • **(n)** अदलाबदल; वाटाव; □ अदलाबदलेचें, विनिमयाचें ठिकाण (देखीक= स्टॉक एक्स्चेंज; टेलिफोन एक्स्चेंज).

exchequer (n) सरकारी दुडवां-खातें; अर्थविभाग; राज्यकोश.

excise (n) उत्पादन, अबकारी पटी; • **(v)** कातरून, काडून उडोवप.

excite (v) उचांबळावप; चाळोवन घालप; चेतोवप; किंवार हाडप; • **exciter (n)** उतेजक; • **exciting (adj)** चेतोवपी; आंगार कांटो फुल्लोवपी; उमेद हाडपी.

exclaim (v) रागान, अजापान, अचकीत आड्डप; रागान, चड अजापान उद्गार काडप; कंकासप; दुर्खान किळांचप; • **exclamation (n)** उद्गार.

exclude (v) कडाळप; कडमरावप; भायरावप; भायर दवरप; पेल्यान करप; आसपावन घेनामतना रावप; • **exclusion (n)** कडाळणी; • **exclusive (adj)** थारावीक (वर्गापासतची शाळा).

excommunicate (v) वर्जप; (क्रिस्तांव धर्मात) भायरो करप; बहिश्कार घालप.

excreta (n) गू; मूत; शेण; भायर; • **excrete (v)** हागप; मुतप; संडासाक बसप.

excruciate (v) तळमळावप; वलवळावप.

exculpate (v) निरपराधी थारावप; मानप; किचांट फाटीं घेवप.

excursion (n) मौजेची भोंवडी; सफर; सहल.

excuse (v) भगसप; माफी करप; भगसणी दिवप; □ मेकळीक दिवप; गैरहाजिरी माफ करप; • **(n)** भगसणी; माफी; □ समर्थन; नीब.

execrable (adj) नश्टो; अमंगळ.

execute (v) पाळो दिवप; फर्मान लागू करप; □ फर्मानाप्रमाण जिवानशीं मारप; □ कार्यावळ सादर करप; □ कागदपत्रां कायद्याप्रमाण तयार करप.

executive (n) प्रशासक; कार्यदर्शी; □ कार्यकारिणी; मेजमंडळ; वावुरपी समिती;

• (adj) वावुरपी (समिती).

exemplary (adj) देख घेवपासारको; देखघेणो; देखदिणो; आदर्श.

exemplify (v) देखीक दाखोवप; सांगप; उकशमा सांगप; प्रसंगाचो दाखलो दिवप; दृश्टांत सांगप.

exempt (v) सूट दिवप; मेकळीक दिवप; • **(adj)** सूट फावो जाल्लो; वगळ्ळेलो; कडाळ्ळेलो.

exercise (n) कवायत; कसरत; व्यायाम; □ अभ्यास; गणीत; पाठ; □ आचरण.

exert (v) पुरो जायसर काम करप; कुडीक तकालस दिवप; काडाओडी, धकचपाटे, धांवधपट्यो काडप; उखला-दवरी करप.

exhale (v) उसवास सोडप.

exhaust (n) हवा भायर वचपाची वाट; • **(v)** पुराय खर्चप; सोंपोवप; वापरप; रितो करप; (धुंवर बी) ओडून काडप; जिवाक पुरो जावप; पुरो करून घेवप; • **exhaustion (n)** पुराय थकणी; • **exhaustive (adj)** पुराय; संपूर्ण; जातूंत सगळें आसपावलां असो.

exhibit (v) प्रदर्शन मांडप; दाखोवंक दवरप; प्रदर्शनांत मांडप; • **(n)** प्रदर्शनांत मांडलेली वस्त; पुरावो म्हणून दाखल केल्ली वस्त; • **exhibition (n)** प्रदर्शन; दाखोवण.

exhilant (adj) धादोशी करपी; धादोसकाय दिवपी; उर्जा जागोवपी; उमेद हाडपी.

exhort (v) विनवप; बऱ्याची बुद्द दिवप; शिटकावप; सल्लो दिवप.

exhume (v) पुरिल्लें मडें परतून भायर काडप.

exigency (n) संकश्टा काळार, ताकतिकेन उपाय घेवपाची परिस्थिती; कितेंय करुंकूच जाय अशी घडी; • **exigent (adj)** गरजेचो; ताकतिकेचो.

exile (v) देसाभायर धांवडावप; देशोधडीक लावप; घराभायरो, गांवाभायरो करप; • **(n)** देसाभायर वचपाची ख्यास्त; देभासायर रावचें पडिल्ली व्यक्ती (राजकी कारणाक लागून बी).

exist (v) प्रत्यक्षांत आसप; जिवो आसप; वर्तप.

exit (n) भायर वचपाचें दार वा वाट; • **(v)** भायर वचप; प्रस्थान करप; माचयेवयल्यान विंगेंत वचप.

exodus (n) भायर वचपी लोकाची खेट; देस सोडून लोकाचें भायर वचप.

ex officio (adv) हुद्याच्या, पदाच्या नात्यान.

exonerate (v) किचाटांतल्यान मेकळो करप; घाल्लें बगलांट फाटी घेवप; कायद्याच्या बचक्यांतल्यान मेकळो करप.

exorbitant (adj) खूब चड; सुमाराभायर चड; जबर; भारी.

exordium (n) प्रस्तावना; सुर्वेचीं उतरां.

exotic (adj) थळावो न्हय; परको; सामको वेगळो; आथवो.

expand (v) आकार, म्हत्व वाडप; वाडोवप; ताणप; पसरप; पसरावप; पातळावप.

expanse (n) वाड; विस्तार; व्हड सुवात; पसरण.

ex parte (adv) संबंदीत पक्ष नासतना; एका पक्षाचे गैरहाजिरेंत; एकतर्फी.

expatiate (v) विस्तारान उलोवप, बरोवप, मांडप.

expatriate (adj) निर्वासीत; आपल्या देसांतल्यान भायर घाल्लो; देशोधडीक लागिल्लो.

expect (v) आस बाळगप; सुमार करप; वाट पळोवप; अपेक्षप; • **expectation**

(n) आस; अपेक्षा; □ अदमास; सुमार.

expedient (adj) परिस्थितीक फावोशें; योग्य; वेव्हारीक; फायद्याचें.

expediency (n) प्रसंगाक फावोशी करणी.

expedite (v) बेगीन करप; सडसडीत करप; • **expeditiously** (adv) बेगीन; सडसडीत; झटपट; सरट करून.

expedition (n) शुजाक, घुरयेंचेर वचपी दळ; मोहीम; यात्रा.

expel (v) धांवडावप; भायर घालप.

expend (v) पयसो, वेळ मोडप; उपेग करप; खर्च करप; सोंपोवप; • **expenditure** (n) खर्च; मोडिल्लो दुडू.

expense (n) खर्च; फाकाय; व्यक्तीगत खंयचोखातीर लागतलो पयसो; मोल; दर; • **expenses** (n) कंपनीच्या कामापासत खर्चिल्लो आनी करनीन सोशिल्लो खर्च; • **at the expense of** (भलायकेचें) मोल फारीक करून; खुस्तार; • **expensive** (adj) म्हाग; वड खर्चांचो.

experience (n) अणभव; पडटाळो; • (v) अणभव घेवप, घेवप.

experiment (n) प्रयोग; पारख; अदमास; • (v) प्रयोग करप; • **experimental** (adj) प्रयोगीक.

expert (adj) जाणकार; फिशाल; तज्ञ; खांपो.

expiate (v) प्रायश्चित घेवप; पानवळ भोगप.

expire (v) मरप; जिवीत सोंपप; □ मुजत सोंपप (वस्तूदाची वी); • **expiry** (n) अंत; शेवट; मरण; • **expiry date** (खंयदाची वी) निमाणी तारीख.

explain (v) अर्थ सांगप; कारण सांगप; विसकावन वर्णप; समजावप; स्पश्ट करप; • **explanation** (n) समजाविशी; समजणी; कळाकळी; कारण.

expletive (n) राग परगटावपी उदगार; वाक्य पुरतें करूंक वापरचेलें अर्थहीन उतर.

explicable (adj) समजाविशी, फोडणिशी दिवपाक येत असो.

explicit (adj) स्पश्ट आनी पुरायेन सांगिल्लो; दुबावाक सुवात दवरना असो.

explode (v) स्फोट, फार, बार जावप वा घडोवन हाडप; • **explosion** (n) स्फोट; फार; बार; धडाको; □ उमाळो; □ (लोकसंख्येंत वी) अचकीत जाल्ली वाड; • **explosive** (n) स्फोटक; दारू-गुळो; □ (adj) स्फोट वा फार जावये असो; □ (परिस्थिती) सामकी गंभीर.

exploit (n) पराक्रम; साहस; धाड्शी करणी; • (v) बऱ्या कामाक वापरप; □ (व्यक्तीचो, वस्तूचो) आड-फायदो घेवप; • **exploitation** (n) आपल्या फायद्यापासत घेतिल्लो दुसऱ्याचो गैरफायदो.

explore (v) नवे गजालींचो सोद घेवपाखातीर भोंवडी काडप; लक्ष घालून तपासप.

exponent (n) सभेमुखार मांडपी; सामकार दवरपी; सादर करपी.

export (v) परदेसाक म्हाल धाडप; निर्गत, निर्यात करप; • **exports** (n) निर्यातींचो म्हाल.

expose (v) उजवाडा हाडप; उकताडा हाडप; उकतें दवरप वा सांडप; • **exposition** (n) फोडणिशी; विवरण; □ व्हडलें प्रदर्शन वा दाखोवण; □ पवित्र वस्त लोकाच्या दर्शनाक दवरपाचो सुवाळो.

expostulate (v) विरोध परगटावप; सडीक सांगप; उजरावन काडप.

expound (v) समजावप; विसकावन सांगप; अर्थ लावप.

express (v) उतरांनी वा कुरवांनी मांडप

वा सांगप; परगटावप; • **(adj)** स्पश्ट; □ जलद; गतीमान; • **expression (n)** म्हणणें; दाखोवण; उतरांनी, हातवाऱ्यांनी सांगणें.

expressive (adj) परिणाम जायसारको; अर्थभरीत; भाव परगटावपी.

expropriate (v) दुसऱ्याची जमीन बी कायद्याच्या आधारान (भौशीक कामाखातीर) ताब्यांत घेवप.

expulsion (n) हकालपट्टी; धांवडावणी.

expunge (v) (वळेरेंतलें नांव वा पुस्तकांतलो वांटो; विधानसभेंत उलयल्लीं उतरां) काडून वा कातरून उडोवप.

expurgate (v) पुस्तकांतलो वाचपाक अयोग्य वा पोजडो बी भाग काडून निवळावप.

exquisite (adj) बऱ्यांत बरो; अपरूप; नकसूद; नाजूक; मंजूळ; ओडलायणो.

extant (adj) प्रत्यक्षांत आशिल्लो; नश्ट जावंक ना असो; अजुनूय जिवो आसा असो.

extempore (adj) ऐन वेळार, तयारेविणें, अवचीत केल्लें (उलोवप बी).

extend (v) वाडोवप; लांबोवप; पातळप; पातळावप; आधार दिवप; मुखार काडप; भेटोवप; • **extensive (adj)** आकारान व्हड; खर्चान चड.

extent (n) आवाठ; लांबाय-रुंदाय; आकार; प्रमाण; शीम.

extenuate (v) अपराध दिसता तितलो गंभीर न्हय अशें भासोवप.

exterior (n) भायलो वाटार वा आवाठ; भायलें आंग; □ राश्ट्राभायलो प्रदेस; परदेस.

exterminate (v) मुळासयत ना करप; मारून ना करप; खलास करप; सोंपोवप.

external (adj) भायलो; भायले वटेचो; □ परदेसासंबंदीत.

extinct (adj) सोंपिल्लो; पालवल्लो; ना जाल्लो.

extinguish (v) (उजो उदकान) पालोवप; वाडोवप; ना करप.

extol (v) तोखेवप; कौतूक करप.

extort (v) भेशटावन काडून घेवप (लोकांकडल्यान पटी); अन्यायान हातासप.

extra (adj) अदिकतराचो; अवांतर; चडावत; • **(n)** अदिकतराची वस्त; सिनेमांत बी काम करपी अदिकतराची व्यक्ती; आलायतो.

extract (v) (रोस) पिळून काडप; □ हुमटप; □ कश्टांनी साध्य करप; वेंचीक वांटो काडप (पुस्तकांतलो); • **(n)** अर्क; कसाय; सार; अगळ; वेंचीक वांटो.

extradite (v) (वर्तनाच्या दुबावाक लागून) परदेशी मनशाक ताच्या देशांत रवाना करप.

extraneous (adj) अवांतर; विशयाक सोडून आशिल्लो; भायलो.

extraordinary (adj) असाधारण; सामान्याभायलो; खाशेलो; अपरूप; अजापाचो.

extravagant (adj) उधळो; फोल्गी; नश्टखर्च करपी; पयशे कशाकशे मोडपी; आवरणें नाशिल्लो; □ म्हारग.

extreme (adj) अंतीम; निमाणो; शेवटाचो; पयशिल्लो; तोंकाचो; □ कडक; कठोर; • **(n)** शेवट; अंत; तोंक; पराकाश्टा; • **extremity (n)** तोंक; तेंगशी; आकंठ.

extricate (v) अडचणींतलो भायर काडप; सुटका करप.

extrinsic (adj) भायलो; आलायतो; गरज नाशिल्लो.

extrovert (adj) चार चौगांतलो; भायल्या जगांत रमपी; □ देखाव्याचो; भपके करपी.

extrude (v) पिळून काडप; बळान भायर काडप.

exuberant (adj) खूब उमेदीचो; रसरशीत; जिवसाणीचो; घसघशीत; चकचयाळ.

exude (v) (हूम वी) निथळप; (घमघम) पसवप; (आत्मविस्वास) फांकप; फांकारप.

exult (v) (जैताक लागून) खोशयेन नाचप; चड खोस मनोवप.

eye (n) दोळो; नदर; दिश्ट; **eyeball** (n) दोळ्याची मडोळी; • **eyebrows** (n) भोंवयो; • **eye-catching** (adj) नदरेंत भरसारको; • **eyelid** (n) दोळ्याची पाती; मलपी; • **eye-opener** (n) जाग हाडपी घडणी; शाणेपण शिकोवपी गजाल; • **eyesore** (n) बुरशी सुवात वा वस्त; पळोवंक वीट दिसपासारकी सुवात वा वस्त; □ दोळे दुखपाची पिडा; • **eyewitness** (n) प्रत्यक्षांत प्रसंग घडटा तें पळोवपी गवाय; • **hair of eyelid** (n) आसकटी.

eyrie, eyry (n) घोणींत ऊंच बांदिल्लो घोंटो; :: वयल्या पांवड्याची सुवात.

●

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
655
विश्व कोंकणी प्रतिष्ठान

F f

F f रोमी अक्षरमाळेचें सवें अक्षर.

fable (n) बोधकथा; देखदिणी कथा; अद्‌भूत कथा.

fabulous (adj) अजापाची (कल्पना); फकत काणयांनी आसूं येता असो (प्राणी बी); येवजणेंतलो; □ चड बरो; खोसदिणो.

fabric (n) लुगट; वस्त्र; □ कितेंय घडोवंक लागपी घटक वा वस्त.

fabricate (v) निर्माण करप; □ खरें न्हय अशें घडोवप (बगलांट बी); रचप; फटीचीं कागदपत्रां तयार करप.

facade (n) इमारतीचो मुखावयलो रुपकार; फुडो; मुखभाग; दर्शनी भाग; भायलें रुपडें; वयलेचाराचो देखावो.

face (n) मुखामळ; नुरा; तोंड; रूप; फुडो; □ बोंचो; खुमणें; मुसकट; □ **(v)** तोंड दिवप; फुडो करप (प्रसंगाक बी); • **face-lift (n)** इमारतीक नव्यान रंग बी काडून दिल्लें सोबीत रूप; • **face saving device (n)** लज वाटावपाची मांडणी; • **face value (n)** दर्शनी मोल; • **face the music (v)** केलां तांचें पानवळ भोगप; • **lose face (v)** नांव घाणावप.

facet (n) तास; आंग; विशयाचो वांटो; बाजू; □ कोर्तसांव.

facetious (adj) फकाणां करपी; हांसयणो; गंभीर न्हय असो.

facile (adj) सोपें; करूंक, जोडूंक सोपें; वयलेंवयलें; किटकिटी विरयत काम दिवपी (यंत्र).

facilitate (v) सोपें करप; शक्य जावप; मुखार व्हरप; • **facility (n)** सोपेपण; सवलत; सुविधा; • **facilities (n)** वावराचें सायित्य.

facsimile (n) चित्र वा फोट्याची तशातशी प्रत; प्रतिरूप; प्रतिकृती; बराबर नकल.

fact (n) वस्तुस्थिती; घडिल्लो प्रसंग; करणी; जाल्लें काम; सत्य; तथ्य; • **factual (adj)** प्रत्यक्षांत घडिल्लो; घडला तसो; सत्य; वस्तुस्थितीक धरून जाल्लो.

faction (n) पंगड; पक्ष; आपसांत झगडटल्यांतलो एक वांटो; • **factious (adj)** झगडाळ; फूट घालपी; फूट पडून जाल्लो (वांटो).

factitious (adj) अडेचो; आलायतो; नकली.

factor (n) घटक; कारण; नीब; तत्व.

factory (n) फॅक्टरी; कारखानो.

faculty (n) निजाची कुशळताय; कुवत; तांक; आत्मीक बळ; □ शिक्षणाचो फांटो; शिकोवपी पंगड.

fad (n) कांय काळापुरतो नाद; पिशें; कोल्ल; खूळ; टूम.

fade (v) रंग, चकचकसाण उणी जावप; विटप; □ बावप.

fag (n) उबगण हाडपी काम; खरशेणेचो वावर; • (v) चड कश्ट काडप; पुरे जायसर वावरप; पुरे करप; • **fag end** (n) सिगाराचें पोंतेर; कसलेय गजालीचो सामको निमाणो भाग.

faggot (n) जळवाची भरकुटी; भरो.

Fahrenheit (n) फारनहाइट थरमामीटर (जातूंत गोठेवप 32 अंशाचेर आनी सळसळप 212 अंशाचेर दाखयल्लें दिसता).

fail (v) अपेस येवप; अपेशी जावप; नपास जावप; दिवाळें काडप; भलायकी ही वगडावप; चुकप; खळप; बळाचे बाबतींत उणो पडप; • **failing** (n) चूक; अमकताय; • (prep) येना जाल्यार; करिना जाल्यार; • **failure** (n) अपेस; इबाड; नपास जावप; □ अपेशी मनीस वा वस्त; □ न्हयकार.

faint (adj) अशक्त; दुबळो; धील; मंद; अधूक; □ (n) घुंवळ; चिनारी; • (v) घुंवळप, घुंवळून पडप; चिनारून पडप; • **faint-hearted** (adj) भिजूड; फुकफुको; हुलके-काळजाचो.

fair (adj) सुदर; सोबीत; निवळ; निर्मळ; स्पश्ट; गोरो; उजू; नीतवत; न्याय्य; योग्य; सर्वसाधारण; सगल्याकडेन सारको; • (n) जात्रा; मेळ; फेस्त; बाजार; सांत; फेरी.

fairy (n) परी; जायेसान लहान, सुदर तशी नाजूक, पांखा आशिल्ली आनी चमत्कार करपी कल्पीत व्यक्ती; • **fairy tale** (n) परिकथा.

fait accompli (n) तडीक पाविल्लें कार्य; घडून गेल्ली गजाल; करून जाल्लें काम.

faith (n) श्रद्धा; विस्वास; भरिभार; भरवंसो; भावार्थ; □ धर्मीक मत; □ इमान; • **faithful** (adj) प्रामाणिक, उतराचो; निश्ठावान; □ खरो; सत्य (परिस्थिती).

fake (adj) अडेचो; बनावटी; नकली; फटींचो; तड्डकी; • (v) फटोवपाखातीर तड्डक करप (दुसऱ्याची निशाणी ही करप).

falcon (n) एक पक्षी जो मांसाचेर जियेता; शिकाऱ्याक मजत करपी एक पक्षी; मसाणो; गिद्धो; कांकणसावळो.

fall (v) (झाडावयल्यान फळ) खाला पडप; (कित्याचेरूय अचकीत लक्ष) पडप; (जोर) देंवप; (न्हिदून) पडप; (मोगांत) पडप; नश्ट जावप; • **falls** (n) घसघसो; धबधबो; घोगो; □ शारद रुतू; (अमेरिकेंत) धंडेचे दीस.

fallacy (n) चुकीचो युक्तिवाद; वांकडो समज; चूक धारणा; श्रम; आभास; फटवण.

fallible (adj) जाचेकडल्यान चुको घडूं येतात असो (मनीस सभाव); घाळपी.

fallow (adj) उत्पत्र दिवपी पूण रोयनासतना दवरलेली (जमीन); पडंग (भूंय); □ मातये रंगाचो.

false (adj) खोटो; फट; फटकिरो; लटीक; कपटी; घातकी; देखाव्यापुरतो; बनावट; • **falsehood** (n) असत्य; फट; कपट; • **falsification** (n) फटोवपाच्या हेतान बदलप; बनावट करप; • **falsity** (n) विस्वासघात; कपट; बयमानी; फट; तड्डक.

falter (v) आडखळप; उलयतना चुकप; भियेल्लेभाशेन फाटोफुडें जावप; धीर सोडप; चलतना कडकडप.

fame (n) कीर्त; नामना; नांवरूप; लोकीक; खबर; वार्ता.

familiar (adj) दाटी आशिल्लो; संवकळीचो; परिचयाचो; वळखीचो;

घोळटिकेचो.

family (n) कुटुंब; घराणें; घराबो; परिवार; बायलभुरगीं; बिराड; • **family planning (n)** कुटुंब नियोजन; • **family tree (n)** वंशवृक्ष; वंशवाल; • **familial (adj)** घराब्यासंबंदीत.

famine (n) दुश्काळ; दुकळ; सुको; उणावाची परिस्थिती.

famish (v) उपाशीं पडप; उपास भोगप, काडप.

famous (adj) नांवाजतो; नामनेचो; फांकीवंत; जाणें नांव जोडलां असो.

fan (n) आयणो; पंखो; □ भक्त; नादयो (कोणाय कलाकाराचो).

fanatic (adj) धर्मपिसो; कट्टरपंथी; दुराग्रही; • **fanaticism (n)** धर्मपिशें.

fancy (n) आवड; ओड; रूच; □ कोल्ल; नाद; □ स्वैर कल्पना; • **(adj)** नवलाचो; विचित्र; रंगीबेरंगी; • **(v)** कल्पना करप; येवजप; आवडप; मानप.

fanfare (n) गाजघडघड; शिंगांनी बी वाजोवन दिल्लो येवकार वा निरोप.

fang (n) दांत (सुळो कसो); विखाळो दांत (सोरपाचो, सुण्याचो बी).

fanlight (n) दारावयलें वाऱ्याचें आदूफ.

fantastic (adj) अजापाचो; अपरुपाचो; बेस बरो; अशक्यांतलो.

fantasy (n) विस्मीत; स्वैर कल्पना; वाऱ्यावयले घोडे; अजापाची येवजण; □ अपरुपाचें बरप वा संगीत.

far (adv) पयस; पयशिल्ल्यान; • **(adj)** पयशिल्लो; • **(n)** पयस अंतर; • **far off (adj)** पयशिल्लो; • **far sighted (adj)** फुडाराचें चिंतपी; शाणो; जाका दिश्टावो जाला असो.

farce (n) (घो) फार्स; प्रहसन; विडंबन; हांसयणें नाटकुलें वा नाटक; □ फोन्नां; सवंग.

fare (n) भाडें; प्रवासाची तिकेट (तिकेटीचें मोल); प्रवासांतलें खाण-जेवण; • **(v)** प्रवासाक, भोंवंक वचप; प्रगती करप, जावप (परिक्षा कशी जाली?); संवसार, वेव्हार चलप (कशें चल्लां?).

farewell (n) निरोप.

farfetched (adj) चड ओडून वा ताणून धरिल्लो; शक्यतायेपेलो; मूर्खपणाचो.

farina (n) पीठ; मैदो.

farm (n) (घो) फार्म; घरभाट; मळो; • **farmer (n)** शेतकामती; भूंय कसपी.

fascia (n) दुकानाच्या नांवाची बी लाकडाची वा फातराची पाटी.

fascinate (v) भूल पडप, घालप; ओड लावप; दिपून वचप.

fascist (adj) हुकूमशाही पंथाचो; एकाधिकारशाहीचो पुरस्कर्तो.

fashion (n) (घो) फॅशन वा मोद (चड करून कपड्यांची); चालंत काळांत लोकाक आवडपी तरा; ढूम.

fast (n) उपास; • **(v)** उपाशीं रावप; उपास करप; • **(adj)** घट; थीर; सुगूर; □ जलद; गतीमान; (घो) फास्ट; • **(adv)** वेगान; सडसडीत; तुरतुरीत.

fasten (v) बांदप; आंवळप; घट करप.

fastidious (adj) खोडयाळो; तरे धरपी; जाची खोस जायना असो.

fat (adj) धोलयो; फोपसो; गाडगुलांव; • **(n)** चरबी; वस; • **fat lady (n)** धबय.

fatal (adj) मरण घडोवपी; मरणाक कारण जावपी; प्राण घेवपी.

fate (n) अदृश्ट; नशीब; निर्मण; फुडार; भाग्य; • **fateful (adj)** अदृश्टाचो (बऱ्या तशा वायट अर्थान); फुडाराची सुलूस दिवपी.

father (n) बापूय; वडील; □ पाद्री; फादर; □ पुरयत; • **father-in-law (n)** मांव; सासुपाय.

fathom (n) उदकाची खोलाय मेजपाचें माप; स फीट खोलाय; मनाची खोलाय; • **(v)** विशयाचो खोलायेन अभ्यास करप; खोलाय, अगडाय समजप.

fatigue (n) तकस; तकालस; थकणी; कश्ट; शीण.

fault (n) उणाव; दोश; □ चूक; घळयेपण; □ अपराध; गुन्याव; • **faulty (adj)** दोश आशिल्लो; सारको नाशिल्लो; इबाडिल्लो; □ वायट.

fauna (n) (वाटारांतली) जीवसृश्ट; प्राणीजात.

favour (n) आधार; उपकार; कृपा; बरेपण; □ पक्षपात; □ पांग; • **(v)** कृपा करप; उपकार करप; फाटबळ दिवप; • **favoured (adj)** बरें-मागतो; बरें-देखतो; खाशेलो; मर्जेतलो; • **favourite (adj)** आवडीचो; जीवनकळेचो; प्रितीचो; मोगाचो.

fawn (n) मेरवाचें पील; • **(v)** मोग दाखोवप; वण्याझाडाह चडोवप; फुलां माळप; हय सायबा करप; सुण्याभाशेन शेंपडी हालोवन लक्ष ओडप.

fear (n) भय; भिरांत; काच; अबको.

feasible (adj) करूंक जायत असो; फावोसो; शक्य; उपेगी; वेव्हारीक.

feast (n) फेस्त; उत्सव; परब; सण; सुवाळो; □ गोडशें; पक्वान्न; खाशेलें जेवणखाण.

feat (n) पराक्रम; साहस; वाड कर्तूब; धाडशी करणी.

feather (n) पांख.

feature (n) खाशेलकाय; □ सभावगूण; □ मुखामळाचो भाग (दोळे, नाक बी); खबरांपत्रांतलो खाशेलो लेख; सिनेमांतलो मुख्य कथानकाचो भाग; • **(v)** सिनेमांत म्हत्वाचो वांटो आसप (कलाकार म्हणून); दाखोवप; सादर करप; • **feature film (n)** कथा आशिल्लो सिनेमा.

February (n) फेब्रुवारी; क्रिस्ती वर्साचो दुसरो म्हयनो.

fecund (adj) पिकाळ; उत्पन्न दिवपी; □ सर्जनशील.

federation (n) संघ; संघराज्य.

fee (n) (घो) फी; शुल्क; सेवेचें दुडवांनी मोल; बिदागी.

feeble (adj) अशक्त; बळ नाशिल्लो; भागिल्लो.

feed (v) पोटाक घालप; जेवण-खाण दिवप; आपणें जेवप-खावप; • **feedback (n)** जावन गेल्ले कार्याविशीवयर लोकांचे प्रतिक्रियेची खबर (फुडलें धोरण थारावंक).

feel (v) अणभवप; भोगप; सोंसप; □ भावप; मनाक दिसप वा लागप; बादप; स्पर्श जावप; • **feeler (n)** स्पर्शक; स्पर्शेंद्रिय (कांय जिवांच्यो मिशयो); लोकभावना समजूंक भायर घाल्ली खबर.

feet (n) (अनेक वचनांत) पांय; (अनेक वचनांत) फूट (बारा इंच).

feign (v) भासोवप; सवंग करप; फोत्र करप.

feint (n) दाव-पेंच; वाडलो धपको हाणचेपयलीं दुस्मानाचें लक्ष दुसरेकडेन वळूंक केल्ली वेगळीच खोड; धापट मारताशें दाखोवन हाणिल्ली जबरदस्त खोंट.

felicitate (v) परबी दिवप; बरें मागप; अभिनंदन करप; भोवमान करप; सूख-भलायकी मागप.

felicity (n) सुख-समाधान; धादोसकाय; सस्तताय.

feline (adj) माजरासंबंदीत; माजराभाशेन.

fellow (n) सांगाती; वांगडी; बराबरीचो; इश्ट; □ शिक्षणसंस्थेचो सदस्य; (घो) फॅलो; □ व्यक्ती (किरकोळ मनीस ह्या अर्थान); • **fellowship (n)** इश्टागतीचे संबंद; सांगात्यांचो पंगड; □ संशोधनापासत पदवीधराक दिल्लो भत्तो; विद्यावेतन.

felon (n) व्हड गुन्यावगार; • **felony (n)** व्हड गुन्याव वा पातक.

felt (n) ल्हंवेचें चेपें करपाखातीर वापरचेलें दाट लुगट; • **felt hat (n)** ल्हंवेचें चेपें.

female (n) नारी; अस्तुरी; बायलमनीस; □ मादी.

feminine (adj) बायलमनशेसंबंदीत; नारीवर्गाविशींचो; □ (व्याकरणांत) स्त्रीलिंगी; • **feminist (n)** नारीवादी; बायलांक दादल्याभाशेन समान हक मागपी.

fen (n) खाजन; न्हंयक वा दर्याक तेंकून आशिल्ली रेंवट जमीन.

fence (n) वंय; दुरीग; आडो.

fend (v) जतनाय घेवप; राखण करप.

fennel (n) बडिशेप.

ferment (v) आंबटावप; आंबटेवप; फुगोवंक घालप; विशिश्ट रसायणीक प्रक्रिया घडोवन हाडप; (पावांखातीर कालयल्ल्या पिठांत यिस्ट घालप; फळांच्या रोसाचो आंबोवन सोरो करप); • **(n)** उमाळो; उचंबळाय; खतखतो.

ferocious (adj) हिंसाळ; क्रूर; रगताक तानेल्लें (जनावर).

ferret (n) एक ल्हान माजराभाशेन प्राणी जो सोशांक वा हुंदरांक बिळांतल्यान हुसकायता.

ferrous (adj) लोखण आशिल्लो (जिनस); लोखणासंबंदीत.

ferry (n) तार; (घो) फेरीबोट; • **(v)** तारींतल्यान पलतडी वचप, व्हरप.

fertile (adj) पिकाळ; फळादीक; • **fertility (n)** सुपीकपण; सुकाळ.

fertiliser (n) पिकाखातीर वापरचेलें सारें.

fervent (adj) काळजाथावन केल्लें (मागणें); कळवळ्याची (प्रार्थना); मनस्पुर्वेचें.

festal (adj) परबेसंबंदीत; उत्सवाचो; खुशालकायेचो; सणा-परबेचो.

fester (n) पूं; मातेर; • **(v)** पुलेवप; फोफेवप; जडावप; कुसप; □ मन कोडसाणीन भरून वचप.

festival (n) सण; परब; फेस्त; जात्रा; दिंडी; □ खोशयेची, संस्कृतीक कार्यावळ.

festoon (n) तोरणां, पताको, बनेरां, घुडयो बी हुमकळायल्ली दोरी.

fetch (v) वचून हाडप; आपोवन हाडप.

fetching (adj) ओडलायणो; भुलयणो; आकर्शक.

fete (n) फंडार्थ कार्यक्रम; पयशे पुंजावंक केल्ली संस्कृतीक कार्यावळ.

fetid (adj) घाण मारता तसलो; घाणयारो.

fetish (n) तावज बी; फितीस.

fetter (n) खोडो; बेडी; सांखळ; • **(v)** बेडी घालप.

fettle (n) मनस्थिती; भलायके-स्थिती.

feud (n) वितुश्ट; कलह; वायटपण; वैर; दुस्मानकाय; □ दोन घराब्यांतली दुस्मानकाय.

feudal (adj) सामंती; • **feudalism (n)** सामंतशाय.

fever (n) जोर; • **feverish feeling (n)** कडामोड.

few (adj) कांय; थोडे.

fez (n) तुर्की तोपी; गोंड्यांची तांबडी तोपी.

fiancé (n) न्हवरो.

fiancée (n) होंकल.

fiasco (n) फिसकटणी; ओमफस; फजेत; अपेस.

fiat (n) आदेश; आज्ञा; सरकारी फर्मान.

fib (v) किरकोळ फट मारप वा तड्डक करप (कोणाचें नुसकान करिना तसलें).

fibre (n) कित्याचोय सुताभाशेन पदार्थ; तंतू; धागो; सूत; □ कालेत; सभावगूण.

fickle (adj) चंचल, खिणयाळो; अस्थीर; तिगना असो.

fiction (n) घडयल्ली, कल्पीत कथा; कादबरी; • **fictitious (adj)** कल्पीत; कल्पनेन घडयल्ली (गजाल); खोटो (हिशोब).

fiddle (n) (गो) फिडल; वायोलीन; वियोल; रेबेक; • **(v)** वायोलीन वाजोवप; □ व्यर्थ कामां करून वेळ इबाडप; विचार करिनासतना लहानशी वस्त घेवन किरायत बसप; □ हिसबाचो, पयशाचो घोळ करप.

fidelity (n) निश्ठा; भक्ती; भावार्थ; इमान.

fidget (v) उळउळप; चुळबुळप; हातपांय उळउळायत रावप.

field (n) शेत; मळ; मैदान; झुजामळ; □ वावराची सुवात; कार्यक्षेत्र; • **salty field (n)** कांतर.

fiend (n) सैतान; राकेस; दुश्ट; क्रूर मनीस.

fierce (adj) हिंसाळ; क्रूर; भयांकृत; आटापा येना असो.

fiery (adj) उज्याभाशेन; □ रागिश्ट; तापपी.

fife (n) एके तरेची लहान मुरली.

fig (n) अंजीर.

fight (n) लटाफट; झगडें; मारामारी; लडाय; झुज; □ आंदोलन; लढो; चळवळ; □ संकश्टाक तोंड दिवपाची तांक; • **(v)** लटाफट करप; मारामारी करप; झगडप; झुजप; • **fighter (n)** झुजपी; □ विमानांचेर फार सोडुंक घडयल्लें एक लहान विमान.

figment (n) कल्पना; घडयल्ली गजाल.

figurative (adj) अलंकारीक; प्रतिकात्मक (भास).

figure (n) आंगलोट; जायेस; आंगठेवण; □ रूप; रुपकार; आकृताय; • चित्र; मुर्ती; बावलें; □ आंकडो; रक्कम; • **(v)** चित्र काडप; येवजप; वांटो घेवप; मुखार येवप; हिशोब करप; आसपावप; • **figures of speech (n)** भाशालंकार; भाशे-मोडी.

figure-head (n) नांवाचो, नांवापुरतो, नामधारी मुखेली; कुकमाचो धनी.

filament (n) बारीक सूत; (विजेच्या दिव्यांतली) सरी; तंतू.

filch (v) चोरप; चोरून व्हरप; फारावप; हातासप.

file (n) कानस; □ कागदां, पत्रां दवरपाची दोड वा फायल; संगणक फायल; □ पंगत; रस्त; हार; ओळ; • **(v)** कानस मारप; □ पत्रां फायल करप; □ हारीन चलप; □ (रिपोर्ट) बरोवप; सादर करप; □ तक्रारीची नोंद करप; • **filing (n)** (कानस मारिल्ल्यान पडिल्लो) चुरो; कीस.

filial (adj) भुरग्यांसंबंदीत; पूत वा धुवांसंबंदीत; संततीसंबंदीत.

filiation (n) कूळ वा मूळ; वंशक्रम.

fill (v) (आयदन) पुराय भरप; (पुस्तकांनी आरमार) भरप; (दोळे दुकानी) भरून येवप; □ (गरज) भागोवप; (नोकरेचो जागो) भरप; आसपाव करप; • **(n)** तृप्ती; पुर्ती; भराव; □ आटाप.

fillet (n) (केंस बांदपाचो) तुगटाचो तीर; फीत; बारीक दोरो; आटी; □ (मांसाचो, तुस्त्याचो) कपो.

fillip (n) उत्तेजन; फाटबळ; दिल्ली उर्बा; □ मारिल्लें चिरपूट; • **(v)** चिरपूट मारप; उत्तेजन, फाटबळ दिवप.

film (n) (घो) फिल्म; पातळ थर; लेप; तेंव; □ फोटो फिल्म; सिनेमा फिल्म; • **(v)** फोटो काडप; छायाचित्रण करप; • **film script (n)** पटकथा; • **film studio (n)** सिनेमा तयार करपाचो स्टुडियो.

filter (n) गाळणें; चाळण; □ (घो) उदकाचो फिल्टर; • **(v)** उदक गाळप; निसावप; पाजरप; □ सवकास येवप वा वचप.

filth (n) घाण; म्हेळ; हळशीक; • **filthy place (n)** खातोण; नरक.

fin (n) नुस्त्याचो पाखटो, शेपटो बी.

final (adj) अखेरचो; निमणो; शेवटाचो; अंतीम; □ निर्णायक; □ बदलूंक जायना असो; • **(n)** निमणो खेळ वा परिक्षा; • **finalize (v)** आटापप; सोंपोवप; निमणो हात भोंवडावप; थाऱ्यार घालप; थारावप.

finale (n) अंत; समारोप; शेवट; पूर्णविराम.

finance (n) दुड्डू; पयसो; भांडवल; वित्त; • **(v)** दुडवांची पुरवण करप (प्रकल्पाक बी); • **financial (adj)** दुडवांसंबंदी; अर्थीक; वित्तीय.

find (v) मेळप; प्राप्ती जावप, करप; पत्तो लावप; सोदून काडप; सोदप; जाणून घेवप; समजप; अणभवप; खरेपण करप; थारावप; दिवप; • **(n)** प्राप्ती; सोद; उपलब्धी; • **finding (n)** निश्कर्श; निर्णय.

fine (adj) बेस बरो; अती उत्तम; सुंदर; सोबीत; नकसूद; नाजूक; पातळ; विरविरीत; बारीक; किडकिडीत; □ धारेचो; • **(n)** दंड; • **(v)** दंड लावप (ह्यास्त म्हणून).

fine arts (n) लळीत कला (काव्य, संगीत, चित्रकला बी).

finery (n) आंगार घाल्लो झगझग; सुंदर भेस, वस्ती बी.

finesse (n) बरे तरेन कोणाक दुखयनासतना कठीण प्रस्न सोडोवपाचें कसब.

finger (n) बोट; आंगूळ; • **fingerprint (n)** बोटाचो छाप.

finicky, finical (adj) खोडी काडपी; खोडयाळो; बारीक सारीक म्हत्व नाशिल्ल्या गजालींनी वेळ वगडावपी; बारीक गजालींपासत आग्रो धरपी.

finish (v) सोंपप; सोंपोवप; पुराय करप; • **(n)** अंत; शेवट; समाप्ती; □ परिपूर्णताय.

finite (adj) शिमे-मेरेभितर आसपावल्ली; मर्यादीत; आरंभ आनी अंत आशिल्ली; परिमीत.

fir (n) देवदार रूख; ह्या रुखाचें मदेर.

fire (n) उजो; अग्नी; □ जाळ; लोळ; □ जोत; • **(v)** उमेद, उर्बा दिवप; □ तापोवन काडप; जिरिबांद दिवप; • **firearm (n)** आर्म; तुबक; बंदूक; • **fire brigade (n)** (घो) फायर ब्रिगेड; उजो पालोवपी दळ; अग्नीशामक दळ; • **firecracker (n)** फुगेट; • **firefly (n)** काजुलो; • **fireman (n)** उजो पालोवपी दळांतलो जवान; • **fireplace (n)** धग मेळपापासत घरांत केल्ली धगटी; • **firewood (n)** जळव; • **fireworks (n)** फोग; □ तापोवणी.

firm (adj) हालना, बदना, बदलना तसलो; थीर; कठोर; घट; • **(n)** व्यापारी संस्था; • **firmness (n)** घटसाण; कठोरपण; कडकसाण.

firmament (n) अंतराळ; आकाश; मळब.

first (adj) पयलो; मुखेल; सगल्यांत

वयलो; मुख्यावयलो; म्हत्वाचो; (adv) पयलीं; पयले फावट; • (n) वयलो क्रमांक; येवपांत वा पावपांत पयलो; • **first aid** (n) अचकीत पिडेंत, अपघातांत सांपडलेल्याचेर वैज येवचेपयलीं करतात ते उपाय; प्रथमोपचार; • **first-class** (n) पयलो, सगल्यांत वयलो दर्जो, पांवडो; (वाहनांतलो) पयलो वर्ग; • (adj) बेस बरो; • **first hand** (adj) प्रत्यक्ष (पळयल्ल्यान सांगिल्ली गजाल); आयकीव न्हय अशी (गजाल).

firth (n) न्हंयचें मूख.

fiscal (adj) दुड्यांसंबंदीत; सरकारी येणावळीसंबंदीत; महामुलामसंबंदीत; भांडागासंबंदीत; • **fiscal year** (n) हिसबाचें वर्स; आर्थिक वर्स.

fish (n) नुस्तें; मासळी; झळकें; (भुरग्यांचें उतर) मेमें; • (v) नुस्तें पागप; दर्यातलें नुस्तें तोकचार उपायानी धरप; सोदप; सोद घेवप; फायदो घेवप; • **young of the fish** (n) कचो; **different small fish together** (n) करबट; काटेबुरड; काह्डुवां; • **head of the fish** (n) शेंगटी; बोडुक; • **stomach of the fish** (n) पोटकळ; • **fisherman** (n) खारवी; पागी; नुस्तेकार; • **fisherwoman** (n) व्यान्न; नुस्तेकान्न; • **row of fish** (n) कमाद; गांथन; • **fish market** (n) नुस्त्या बाजार; □ जंय कलकलाट चलता अशी सुवात; • **fishy** (adj) नुस्त्या संबंदीत; नुस्त्याचो; हिंवळाणीचो; □ भानगडीचो; दुबावाचो; • **fishy smell** (n) हिंवळाण; हिंवसाण.

fission (n) प्रजननापासत कोशाणूं वाटून वचप; विखंडन.

fissure (n) फुटाळ; चील; वेर; फूट; खांच.

fist (n) मूठ; • **tight-fisted** (adj) कंजूस; हिमटो; • **fisticuffs** (n) (घो) बॉक्सींग; मुश्ठीयुद्ध; मुठींची मारामारी; धुमके; कुटले.

fit (n) (घो) फीट; आंकडी; मोडणें; □ (रागाचो) किंवाटो; कूय; • (adj) उपेगी; चलपासारको; □ योग्य; फावोसो; □ तयार; □ भलायकेन बरो; • (v) उपेगी जावप; चप्प बसोवप, लावप; चप्प बसप; जिस्त लागप.

fittings (n) मेजां, कदेलां, पंखे, लायटीचे स्वीच आदी कचेरी वा घराक लागतल्यो वस्तू, आवतां बी.

fitful (adj) कोल्ली; मनांत येता तशो वागपी; चंचल; नाचरो.

fix (n) अडचण; कुचाडें; घुसपण; प्रस्न; कठीण परिस्थिती; • (adj) थीर; • (v) थिगावप; (वगटीक बी) घट लावप; (वस्त) दुरुस्त, सरी करप; (लक्ष) लावप; तयारी करप; थारावप; दसोवप; तयार जावप; तयार दवरप; • **fixture** (n) जोडिल्ली वा घट लायिल्ली गरजेची वस्त (पंखो, नळ, आरमार बी); □ थारायल्ली तारीख वा कार्यावळ.

fizz (v) फेण येवप; बोमाडे येवप; फसफसप; □ उमळून येवप; • (n) फसफस आवाज; नाद.

fizzle out (v) फिस्सकटप; पोल जावप; पालोवप; ओमफस जावप.

flabbergast (v) थटाकप; थटकावप; चकासूर करप, जावप.

flabby (adj) फोपसो; आंगान सुटिल्लो.

flaccid (adj) मोव; विळविळीत; अशक्त; घटसाण नाशिल्लो.

flag (n) ध्वज; झेंडो; बावटो; घुडी; बनेर; • (v) बावटो लावप, दाखोवप;

• बावट्याच्या आधारान खुणावप; • बावटे लावन सजोवप; • मंद पडप; थकप; पुरो जाल्ल्यान गळून वचप; बावप.

flagon (n) कानाचो शिसो; सुरई.

flagrant (adj) धडधडीत (चूक); दोळ्यांत भरता असो; कोणाची पर्वा करिनासतना केल्लो (अन्याय).

flail (n) मुसळ; कांडण.

flair (n) आवड; रूच; □ कळाशी.

flake (n) वजन नाशिल्लो ल्हान कुडको (हिमाचो बी); उबतो कापूस; पातळ कपचो; कपो; • **(v)** कपे वा कपचे काडप, पडप.

flamboyant (adj) गाड रंगाचो; चड थातो-मातो केल्लो; झगझगीत; भपके केल्ल्यान लोकाची नदर ओडपी.

flame (n) जोत; दिवटी; दिवे; चूड; पेटिल्लो काकाडो; □ जाळ; लोळ; • **(v)** पेटप; जाळ, लोळ भायर सरप; □ जाळ पडप; तांबडो जावप.

flange (n) चक्राची वाडयल्ली कड (रेलगाडयेचें चक्र).

flank (n) कूस; वट; हांड; • **(v)** कुशीक रावप; कुशींतल्यान घुरी घालप वा राखण करप.

flannel (n) (घो) फ्लानेल; एके तरेचें लांचें लुगट.

flap (n) लाखाट्याचो, बोल्साचो पाखाटो वा धांपणें; साडयेचो पदर वा पालू; • **(v)** (वाऱ्यान बी) फडफडप, फडकावप.

flare (v) भक् करून पेटप; जोत चकचकप; केणां सोडप; • **(n)** पेट; जाळ.

flash (n) उजवाडाचो झोत; जगलावणें; □ खीण; पळ; □ देखावो; प्रदर्शन; □ मदींच आयिल्ली ताजी खबर; • **(v)** झोत सोडप; उजवाड घालप; जगलावप; पातळावप; वितरावप; • **flashback (n)** मूळ कथा सांगतना फाटली घडणूक सांगप (सिनेमांत बी); • **flashlight (n)** (घो) बॅटरी दिवो; झोत सोडपी दिवो; • **flashy (adj)** चकचकपी; लकलकपी; नकली; अडेचो; खिणयाळो.

flask (n) ल्हान तोंडाची चेपटी बाटली.

flat (adj) तळान सारको; सपाट; वयर सकयल न्हय असो; □ निर्जीव; निर्शेल्लो; स्पश्ट; □ (टायर) फूक नाशिल्लो; • **(n)** रावपाचो फ्लॅट; • **flatten (v)** एका तळार हाडप; सपाट करप; मंद पडप; (टायराची) फूक वचून चेपप.

flatter (v) फुलां माळप; चण्या झाडार चडोवप; फुसलावप; • **flatterer (n)** भाट; • **flattery (n)** खुशामत.

flattulence (n) वाय; वातरोग; • **flatulent (adj)** वातूळ; वायखोर; • बडायो मारपी.

flaunt (v) वावडप; फडफडावप; मिरोवप.

flavour (n) रूच आनी वासाचो दमदम; खाशेली रूच; (न्हयकारान वापरपाचें उतर) आतुसाण-पातुसाण; • **(v)** वास घालप; सुवादीक करप; रुचीक करप; दमदमीत करप.

flaw (n) दोश; कसर; चूक; उणाव; खोड; कितें पूण उणें; • आयब.

flax (n) सणमियांचें झाड; (हाचेपासून सणी सूत करतात).

flay (v) चाबकान कात सोलप; चामडें काडप; □ उतरांनी सोलून काडप; उजरावप.

flea (n) हुलूक; किरट; चिरू; • **flea market (n)** पोरण्या वस्तूंची रस्त्यावयली फेरी.

fledge (v) शेवण्याच्या पिलाक उडूंक येमेरेन उस्तवारी काडप (पिलाचे आवयन); • **fledged (adj)** (पील) पांखां फुटिल्लें; जाका उडूंक येता अशें; □ प्रशिक्षित

(विमान पायलट, डॉक्टर बी).

flee (v) पळप; पळून वचप; नाच्च जावप; चुकोवप; □ (दीस) बेगीन सोंपप.

fleece (n) मेंढराची ल्हंव; • (v) ल्हंव कातरप.

fleet (n) लस्करी तारवांचो तांडो; आरमार; □ एका मालकाच्या वाहनांचो तांडो; • (adj) चपळ; तुरतुरीत वचपी.

flesh (n) मांस; □ गरोप; □ मनीस-सभाव; • **fleshy** (adj) मांसाळ.

flex (v) बाग घेवप वा बागोवप; • (n) वेश्टिल्ली विजेची तार; • **flexible** (adj) बागोवंक जाता असो; परिस्थितीकडेन जुळोवन घेवपी; लवचीक; वांकयो; लवको.

flick (n) चिरपूट; • (v) चिरपूट मारप; चाबकान थापटप.

flicker (v) लुकलुकप; पेट्टा-पालवता जावप; (पालोवचे पयलीं) मंद जावप; (पानां) फडफडप.

flight (n) विमानाचो प्रवास; उड्डाण; पळापळ, पळणी; झोपय; □ शेवण्याचें भिरें.

flighty (adj) (चली) नाचरी; चंचल.

flimsy (adj) सारकी जतनाय घेनासतना कशाकशे एकठायल्ले; □ सोपेपणीं मोडत असो, इबाडत असो; पटूंक कठीण असो (मुद्दो); तगूंक कठीण असो.

flinch (v) फाटी सरप; आकांतान वा दुखीक लागून आग काडप; आग चोरप.

fling (v) नेटान शेवटून मारप; शेवटप; बेगीबेगीन व्हरून घालप (बदखणींत); आंगार कपडे बेगीबेगीन घालप वा काडप; रागान बी भायर वचप; • (n) मौजा मारपाची कूय.

flint (n) चकमक; घर्शणान पेटपी फातर; कुपातर.

flip (v) चिरपूट मारप; चिरपुटान (नाणें) वयर उडोवप.

flippant (adj) अरवळ; आचरट; वाचाविदळ.

flirt (adj) (चली) नाचरें; फुलगें; कोणाय बरोबर भोंवपी.

flit (v) शेवण्याभाशेन भुर्र करून उडून हांगा-थंय बसप; सुवात बदलत रावप; नाच्च जावप.

float (v) उदकांत उफेवप; (कुपां) मळबांत उबत वचप; भोंवप; • (n) उफेती वस्त; □ सांगड; चित्ररथ; • **floatation** (n) (संस्था बी) स्थापन करप, घडप; (रीण) काडप.

flock (n) बोकडांचो वा मेंढरांचो हिंड; सुकण्याचें भिरें; लोकाचो व्हड जमो; • (v) एकठांय जमप.

floe (n) उदकांत उफेवपी बर्फाचो पातळ थर.

flog (v) चाबकान वा शिट्टेन मारप; • **flogging** (n) चाबकां; चाबकांचो मार.

flood (n) हुंवार; लोट; और; □ भरती; बुडटी; □ घोग्यांचो पावस; उटंगार; • (v) हुंवार येवप; हुंवारांत बुडप; व्हांवप; बुडटी येवप; • **floodlight** (n) खेळांमैदान वा इमारतीचेर सोडिल्लो खर उजवाड वा उजवाडाचो झोत.

floor (n) घरांतली लादी; जमनीचो तळ; दर्यांचो तळ; □ मजलो; माळी; माळो; □ माची; • (v) तळ करप; भुंयेर उडोवप; हारोवप.

flop (v) घो करून पडप; (नाटक बी) अपेशी थारप, पडप; • (n) अपेशी व्यक्ती.

flora (n) खंयच्याय प्रदेशाची वनस्पत, रुखावळ; • **floral** (adj) फुलांचो; फुलांनी सजयल्लो.

florid (adj) गुलाबी; तांबडोगुंज; गाड;

फुलोराचो; लुसलुशीत; अलंकारीक; □ देखाव्याचो.

florist (n) फुलकार, फुलकात्र; माळी; फुलांचें दुकान.

flotation (n) (संस्था बी) स्थापन करप; उबें करप; घडप; (रीण) काडप.

flotilla (n) ल्हान तारवांचो पुंजुलो.

flounce (v) हात-पांय धाडायत रागान भायर वचप; • **(n)** झालर; गोट.

flounder (v) हात-पांय मारप; धडपड करप; □ उलयतना घुसपप आनी कित्याकितें उलोवप; कांचवेवप.

flour (n) पीठ; □ बुको; चूर्ण; • **flour mill (n)** पिठा-गिरण; • **rice-flour (n)** आळेण; • **wheat flour (n)** गंवां-पीठ; मैदो.

flourish (v) चंवरप; फुलप-फळप; (धंदो बी) तरतरप, रसरशीत वाडप; □ हातांतली वस्त वावडप; • **(n)** नेटोवणी; कंगरखीस; अलंकारीक भास.

flout (v) अपमान करप; किरकोळावन बकच्छाय करप.

flow (n) लोट; व्हांवती; गती; धांव; वाट; दिशा.

flower (n) फूल; चंवर; चामळ; • **(v)** फुलप; चंवरप; फुलोर येवप; • **flowery (adj)** फुलांनी भरिल्ली; अलंकारीक; सोबेची.

flu (n) (घो) फ्लू; इन्फ्लुयेंझा; □ थंडी आनी फोडाफोडीसयत जोराची पिडा.

fluctuate (v) वयर-सकयल जावप; ल्हान-व्हड जावप; अदीक-उणो जावप; फुडें-फाटीं जावप; बदलत रावप.

flue (n) धुंवराची चिमणी; धुंवराळें; धुराडें.

fluent (n) झरझरीत, सुडसुडीत (उलोवप); उलोवपांत कुशळ; • **fluency (n)** उलोवपाची सुडसुडाय; झरझर उलोवपाचें कसब.

fluff (n) लुगटावयलो ल्हंवेचो थर; • **(v)** मोवमोव करप; □ कितेंय करतना घाळप; माचयेर उलयतना भाशण विसरप.

fluid (n) द्रव; वायू; पातळ पदार्थ; • **(adj)** उदकाभाशेन व्हांवपी; सुडसुडीत; व्हांवतो; अस्थीर.

fluke (n) दैवयोग; नशिबान जाल्ली जोड; अनपेक्षीत लाव; नांगराचो फाळ.

flunkey (n) शेरको; पाळवो; (वरिश्ठाचे) फाटी-फुडें नाची करपी मनीस.

flurry (n) कड; जाळ; उचांबळाय; नेटाचो वाव; तडाको; वावराक आयिल्लो ओतो.

flush (v) उदकाच्या लोटान निवळ करप; नेटान सोडप (उदक); □ लजप; (पोले) तांबसार जावप; • **(n)** लोट; झोत; □ तांबसाण; लाली.

fluster (v) काचाबूल करप, जावप; उचांबळप, उचांबळावप.

flute (n) मुरली; बांसरी; शेनाय.

flutter (v) (पांखटे) फडफडावप; (मन थाऱ्यार नाशिल्ल्यान) फावटी मारप; • **(n)** तळमळे; फडफड.

fluvial (adj) न्हंयेसबंदीत.

flux (n) लोट; व्हांवती; ओतो; भरती; □ (लागून घडपी) बदल.

fly (n) मूस; पांखटे आशिल्लो बारीक जीव; • **(v)** उडप; अंतराळांत भोंवप; विमानान प्रवास करप; बेगीन वचप; □ बावटो हुबोवप; पतंग, सरंगो वाऱ्यार सोडप.

foal (n) (घोड्याचो वा गाढवाचो) पिलो; पेटो; घोडूक; • **(v)** वियेवप.

foam (n) फेण; फेणेर; तोंडांतलो निथू; □ उशांत, कुलच्यांवांत भितर घालतात तो फोम; • **(v)** फेण येवप; रागार जावप.

fob (n) (घडयाळ दवरपाचें) बोल्स; घडयाळीची नक्षीची सरपळी.

focus (n) केंद्रबिंदू; मदेवर्ती सुवात.

fodder (n) गोरवांची खावड; पालो; पालय; चरव; पेंड.

foe (n) दुस्मान; शत्रू; वैरी; □ विरोधी.

fog (n) दाट धुकें.

fogey (adj) पुराणमतवादी; पोरण्याक वेंगावन जियेवपी.

foible (n) उणेपण; दुर्बळकाय; दोश; तूट; त्रुटी.

foil (v) फिसकटावप; प्रयत्न अपेशी करप; • (n) बेगड; चकचकपी कागद.

foist (v) दुसऱ्याचेर लादप; (खोटी वस्त तडफकान दुसऱ्याक तेंकोवन) आपणे साव जावप.

fold (n) (मेंढरां वा बोकडांचो) उकतो गोठो; खेडायल्ली उकती लहानशी सुवात; आलाशिरो; □ धर्मीक पंथ; □ घडी; दोड; मिरी; • (v) दोडप; दोड घालप; घडी करप; मिरयो घालप.

foliage (n) पानां; पालय; पालो; सावड.

folio (n) मदी दोडिल्ली बरोबपाची फोल; अशा फोलींची पटी.

folk (n) लोक; जन; • (adj) लोकाचो (नाच); • **folk-dance** (n) लोकनाच; लोकनृत्य; • **folklore** (n) लोकवेद; लोकसाहित्य; • **folk-song** (n) लोकगीत; • **folk-tale** (n) लोककथा.

follicle (n) कातीतल्यान केंस फुटता ते गड; □ बियाभायलो पचकटो वा कल्ल.

follow (v) फाटल्यान वचप; अर्थ समजप; जाणा जावप; अदमास करप; • **follower** (n) फाटल्यान वचपी; शिश्य; अनुयायी; अनुगामी; • **following** (adj) मुखाभयलो; फुडलो; • (n) अनुयायी वर्ग; शिश्यगण.

folly (n) पिशेपण; घळयेपण; पिशां-कारभार; अवेव्हारीपण; चूक.

foment (v) चाळोवन घालप; चिथावप; खुबळावप; □ फूक मारप (पेटूंक); □ (कार्माण) लासप; फौंत बांदप; □ शेकप.

fond (adj) मायेस्त; मोगाळ; जीव लायला असो; • **fondness** (n) माया; मोग; प्रीत; अपुर्बाय; आवड.

fondle (v) मोगान सांसपप; अपुर्बाय, लाड करप.

font (n) कुंड (उदकाचें); इगर्जेत बातिज्म दितना शिपडायतात त्या उदकाचें आयदन.

food (n) अन्न; खाण-जेवण; खाणां.

foodgrain (n) कड्डण.

fool (n) मूर्ख; अक्कल नाशिल्लो; • (v) (दुसऱ्याक) तडफक करप; शिंगां लावप; • **foolish** (adj) पिसो; पिशेपणाची (करणी).

foolscap (adj) (घो) फुलस्कॅप (पेपर: माप 17 x 13.5 इंच).

foot (n) पांय; पावल; तळाचो भाग; □ मेजाचो, कदेलाचो बी खूर; □ फूट (12 इंच); □ कवितेचो गण; • **footboard** (n) वाहनांत चडपाचें सपण; **foothold** (n) चडटना पांय दवरपाची सुवात; खांप; खाणू; □ आधार; • **footing** (n) बुनयाद; **footpath** (n) (घो) फुटपाथ; रस्त्याकुशीतली उबार पांयवाट; पासय; **footprint** (n) पांयातळव्याचो छाप; वाघाचो छाप; • **footwear** (n) जोतें, वाणो, सैंडल, बूट बी.

fop (n) शोकीन मनीस; नेसप आनी नटपा-थटपांत गुल्ल आशिल्ली व्यक्ती; फुलगो.

forage (n) गोरवांची, घोड्यांची खावड; चरव; • (v) सोदपाखातीर उस्तप; □ चरवापासत भोंवप.

foray (n) म्हाल वा गोरवां तुटूंक घुरी, आक्रमण.

forbear (v) सोंसप; धीर धरप; तोल सांबाळप.

forbid (v) हुकुमान मना करप; बंदी घालप; आडावप; आडवारप.

force (n) तांक; बळ; बळगें; शक्त; त्राण; घटाय; भर; □ जुलूम; जबरदस्ती; □ पोलीस; सैन्य; • **(v)** बळाचो वापर करप; जबरदस्ती करप; • **forceful (adj)** नेटाचो; बळ आशिल्लो.

forceps (n) (घो) फोरसॅप्स; वैजाचो चिमटो.

ford (n) न्हंय बालांडूंक जाता अशी उथळ सुवात; पांयांनी न्हंय बालांडप.

fore (adv) फुडें; मुखार; सामकार; • **(n)** मुखावयलो भाग; • **(adj)** फुडलो; मुखावयलो.

forearm (n) कोंपर आनी मनगट हांचेमदलो भाग.

forebode (v) शकून, अपशकून जावप; पूर्वसुची मेळप; अदमास करप.

forecast (v) फुडार सांगप; भविश्य वर्तप; मुखार घडचें आसा तें पयलीं सांगप; • **(n)** फुडार; भविश्य; भाकणी; अंदाज; पूर्वानुमान.

foreclose (v) रीण फारीक करिना ताची अमानत दवरलेली वस्त विकून पयशे उबे करप.

forefather (n) जाणटेलो; पूर्वज; मूळपुरूस.

forefront (n) मुखावयली सुवात.

foregoing (adj) आदलो.

foregone (adj) घडचे पयलींच कळपाचो; थारिल्लो.

foreground (n) फुडलो, मुखावयलो भाग.

forehead (n) कपल.

foreign (adj) परकी; भायलो; परदेसी; विदेशी; आगांतूक; सभावगुणांत नाशिल्लो; आंगाचो न्हय असो; • **foreign exchange (n)** परदेशी हुंडणावळ; • **foreign policy (n)** विदेशनीत; परराष्ट्रीय धोरण.

foreman (n) मुकादम; कारभारी.

foremost (adj) मुखेल; सगल्यांत फुडलो.

forensic (adj) न्यायालयांतलो; न्यायालयांत उपकरावपाचो; • **forensic medicine (n)** कायदेशीर प्रस्नांच्या संदर्भांत वैजकी म्हायतीचो वापर.

foresee (v) फुडार पारखप; सुमार करप; तर्कप; मुखार येवपाचे प्रस्न आदींच जाणा जावप.

foreshadow (v) फुडारासंबंदीत शिटकावणी वा सुलूस लागप; आदींपयलींच चत्राय दिवप.

foreshore (n) दर्याची, न्हंयची देग; कांठ.

foresight (n) दिश्टावो; फुडार नियाळपाची नदर.

forest (n) वन; रान; जंगल; • **forester (n)** रानपाल; वनपाल; • **forestry (n)** रानांची उस्तवारी.

forestall (v) दुसरो जें करचें आसा तें आपणें करून ताका आडावण घालप.

foretaste (v) कितेंय घडचे पयलीं ताचो इल्लोसो अणभव घेवप, येवप.

forever (adv) सदांकाळ; सासणाक.

foreword (n) प्रस्तावना; सुर्वेचीं उतरां (पुस्तकाचो मुखेल भाग सुरू जावचेपयलींचीं).

forfeit (v) (विस्वास, अधिकार, आदर बी) वगडावप; • **(n)** खेळांत बी रडी खेळिल्ल्यान लायिल्लो दंड; दंड फारीक करपाची ख्यास्त; • **forfeiture (n)**

जप्ती.

forge (n) आगटें; भट्टी; • **(v)** धाडावन आनी भट्टेंत घालून धातूची वस्त घडोवप; • (बेकायदा कामापासत) दुसऱ्याची निशाणी बी करप वा खोटीं कागदपत्रां तयार करप; □ वेवस्थीत मुखार सरप; • **forgery (n)** नाडपाखातीर केल्लीं बनावट कागदपत्रां; कागदपत्रांचेर केल्लो कायद्याआड बदल.

forget (v) विसरप; उगडास नासप; याद नासप; • **forgetful (adj)** विसराळू.

forgive (v) भगसप; माफी करप; □ अन्याय विसरप; □ काकुट दाखोवप.

forgo (v) वर्जप; त्यागप; (अधिकार) सोडून दिवप.

fork (n) (घो) फॉर्क; खावपा-जेवपाखातीर उपकरावपाचो कांटो; गार्फ; □ भूंय बोंचावपाचें आवत.

forlorn (adj) एकसुरो; निर्शेल्लो; काकुटवाणो; आलाशिरो नाशिल्लो.

form (n) आकार; तरा; □ बरोवपाचो वा भरपाचो फॉर्म; • **(v)** (संस्था बी) घडोवप; जावप, रूप घेवप; आकार, रुपकार दिवप.

formal (adj) रितीरिवाजांक धरून; उपचारीक; चालीप्रमाण.

format (n) आकार; लांबाय-रुंदाय.

formation (n) घडण; घडणूक; रचणूक; तयार जावपाची प्रक्रिया; तयार जाल्ली वस्त; □ (सैन्याची) मांडावळ; रचना.

former (adj) आदलो; पयलींचो; पयली मुजतींतलो; आतां ना असो.

formidable (adj) भयांकृत; भय रिगोवपी; (अडचणी) हुपूंक अवघड असो; चड व्हड.

formula (n) (घो) फॉर्मुला; गणितांत, रसायनशास्त्रांत बी एकादरी कल्पना थोड्या उतरांनी मांडचेलीं अक्षरां आनी चिन्नां; □ विधी, नेम; पद्दत; रीत; सांचो.

formulate (v) पद्दत थारावप; आंखप; योग्य रितीन करप.

forsake (v) सांडप; सोडप; त्यागप.

forswear (v) सोपूत घेवन (एकादरी वीद बी) सोडप; बंद करप; • **forswear oneself (v)** फटीचो सोपूत घेवप; 'म्हज्यान तर' म्हणप.

fort (n) किल्लो; कोट; दुर्ग; गड.

forthright (adj) उकतो; मेकळो; सरळ; प्रामाणिक; मनांतलें स्पश्ट सांगपी.

fortify (v) घट करप; बळिश्ट करप; घटसाण दिवप; दुर्गाचेर खर राखण दवरप.

fortitude (n) घटाय; धिटाय; त्राण; आत्मीक बळ.

fortnight (n) पंद्रस; पक्ष; • **fortnightly (n)** पंद्रशी नेमाळें; पंद्रशी.

fortuitous (adj) योगायोगान घडिल्लो; दैवयोगाचो.

fortunate (adj) भाग्यवंत; बऱ्या नशिबाचो; □ सुखी; • **fortune (n)** भाग्य; गिरेस्तकाय; धन; संपत्ती.

forum (n) चावडी; चवाटो; माची; मंच.

forward (v) मुखार धाडप; (पोरण्या वयल्यान) नव्या नाम्यार धाडप; • **(adj)** अती सुधारलेलो; सुबेज; अत्रवीद; □ अशिश्ट; □ फुडें सरपी; फुडलो; मुखावयलो; • **forwards (adv)** फुडें.

foster (v) जतनायेन वयर काडप; साबाळ करप; केळोवप; फाटबळ दिवप.

foul (adj) घाणयारो (वास); म्हेळो; □ नीच; □ पोजडो; □ रडी (खेळ); • **(v)** नेम मोडून खेळप; रडी खावप; म्हेळो करप; • **foul play (n)** विस्वासघात; हत्या.

found (v) स्थापन करप; बुनयाद घालप; • **foundation (n)** स्थापन करपाची कृती;

बुनयाद; खास कामाखातीर उबो केल्लो निधी वा तो निधी हाताळपी संस्था; • **founder (n)** (संस्था बी) स्थापन करपी; संस्थापक; प्रवर्तक.

foundling (n) नाका म्हणून सांडिल्लें आनी कोणाक तरी सांपडलेलें भुरगें, बाळक.

foundry (n) (घो) फावंड्री; धातू-साळ; धातू विरगळावन वस्तू करचेलो कारखानो.

fount (n) छापखान्यांतल्या विशिश्ट टायपाचो संच; □ मूळ; झरो.

fountain (n) उदकाचो सोबेखातीर वा पियेवंक घडयल्लो फवारो; झोत; असल्या फवाऱ्याखातीर घडयल्ली बांदावळ; (न्हयचें, गिऱ्यानाचें) मूळ; झरो.

fowl (n) पोशिल्लो खावचेलो पक्षी (कुकड, हांयस बी).

fox (n) कोलो; □ नाडबुद्दीचो मनीस; • **foxy (adj)** तड्डकी; नाड; कोलेबुद्दीचो.

foyer (n) ओटो; पासतीस; हॉटेल वा थिएटराचें पयलें साल.

fracas (n) कलकलाट करून केल्लें झगडें.

fraction (n) ल्हान वांटो वा भाग; अंश; अपुर्णांक.

fractious (adj) धोंसपी; खुबदळो.

fracture (v) (हाड) मोडप; फुटप; वेरेवप; • **(n)** हाडाक, सांद्याक बी आयिल्ली वेर.

fragile (adj) सामको नाजूक; सोंपेपणान फुटपासारको.

fragment (n) कपचो; फुटून निखळ्ळेलो कुडको.

fragrance (n) घमघम; परमळ; सुवास; सुगंध.

frail (adj) कुडीन अशक्त; नाजूक; चंचल; • **frailty (n)** कुडीची असकताय; सभावाची चंचलताय; नाजुकसाण.

frame (n) फासकी; सांगाडो; आयट; मूळ बांदावळ; जायेस; आंगलोट; □ येवजण.

franchise (n) मताचो अधिकार, हक; (व्यापारांत बी) खाशेलो हक.

frank (adj) मनमेकळो; प्रामाणिक.

frantic (adj) (भयान, दुख्खान) उचांबळीत; तळमळ्यांत पडिल्लो; खुबळ्ळेलो; आपले सुवादीन नाशिल्लो.

fraternity (n) भावकी; भावपण; समान ध्येयापासत, कामापासत घडिल्लो एकवट; • **fraternize (v)** भावपण जोडप; एकठांय येवप.

fraud (n) अफरातफर; दुडू जोडूंक केल्ली फटवण; □ अफरातफर करपी व्यक्ती.

fray (n) बोबो मारून केल्लें झगडें; लटापट; मारामारी; दंगो; संघर्ष; झूज; • **(v)** वस्त्राचे धारेर सुतां सुटप; वापरून झिरझिरप.

freak (n) चमत्कारीक कल्पना; विक्षिप्त मनीस, प्राणी वा करणी; • **(adj)** नशाबाज; घुंवळे वखदांची वीद लागिल्लो; मादान जाल्लो.

freckle (n) शीब; लाशें.

free (adj) मुक्त; मेकळो; स्वतंत्र; बंदखणींत नाशिल्लो; बंधन नाशिल्लो; □ फुकट; □ काम नाशिल्लो; उसरपत आशिल्लो.

freedom (n) मुक्ती; स्वातंत्र्य; मेकळीक.

freehold (n) पुराय मालकी हक.

freelance (adj) आपणाक जाय त्या नेमाळ्यांनी बरोवपी (पत्रकार, स्तंभकार बी).

freeze (v) शेकेवप; गोठेवन बर्फ करप, जावप; □ थिजप.

freight (n) गाडीभाडें; म्हाल हाड-व्हर करपाचें भाडें; नोर; □ वजनी म्हाल; वजें.

frenetic (adj) उचांबळीत; तळमळ्यांत पडिल्लो; आपले सुवादीन नाशिल्लो.

frenzy (n) तुतनायक; सांवार; मस्ती;

उन्माद.

frequent (adj) निस्सं निस्सं घडपी; नित्याचो; चालंत; • **(v)** परपरत वचप, भेटप; फावटी मारप.

fresco (n) वणटीवयलें चित्र; प्लास्टर सुकचेपयलीं वणटीचेर वा सिलिंगाचेर काढिल्लें चित्र.

fresh (adj) ताजो; रसरशीत; तट्टटीत; कवकवीत; जिवसाणीचो; नवोतालत; □ नवखो (नोकरेंत बी); □ गोडें (उदक).

fret (v) (कळप्पेन बी) खावप; चाबप; □ सतावप; दुखव दिवप; □ (उदकाचें) उसळत व्हांवप; □ शास दिवप.

friar (n) (कॅथलीक) मठवाशी; संन्याशी.

friction (n) घसटणी; घांसणी; झरवणी; □ संघर्श; तीड.

Friday (n) सुक्रार.

fridge (n) (घो) फ्रीज; रेफ्रिजरेटर.

friend (n) इश्ट; दोस्त; मित्र; आपलो मनीस; आमीग; • **friendship (n)** इश्टागत; दोस्ती; मैत्री; आपलेपण.

frieze (n) वणटीवयली कंगरखीस; कंगरे.

frigate (n) शुजा बोट.

fright (n) दचको; धास्ती; भय; भिरांत; कलकल; कांच • **frighten (v)** भियेवप; भेशटावप; भेकडावप.

frigid (adj) बर्फाभिशेन थंड गुळो; गोठेल्लो; शेकेल्लो; थंड किरांव; □ आपलेपण नाशिल्लो; उमेद वगडायल्लो.

frill (n) झालर; बादी; • **(v)** झालर लावन सजोवप.

fringe (n) देग; कांठ; शीम; □ गोट; झालर; □ (केसांचो) भिश्टां; • **(adj)** वरकड; वर्चील; अवांतर; • **(v)** झालर लावप.

frippery (n) थातोमातो; भपको; बडाय.

frisk (v) नाचप-खेळप; उड्क्यो मारप; खोस परगटावप; **शस्त्र बी** लिपयल्ल्याच्या दुबावान मनशाक सांसपून तपासप.

fritter (v) वेळ, पयसो वगडावप; इबाड करप.

frivolous (adj) चवचाल; थिल्लर; चंचल; उचापती (मनीस).

frizz (v) केंस कोंगरे, मुदयाळे करप; • **(n)** कोंगरे केंस.

frock (n) (घो) फ्रॉक; बायलांचें वा चलयांचें न्हेसण; विशतीद.

frog (n) बेबूक; बेबो; माणको; • **frogman (n)** पाणबुडो; उदकांत बुडी मारून सोद घेवपी.

frolic (n) मौजमजा, नाच, खेळ आदी; • **(v)** नाचून-खेळून खोस मनोवप; मौज-मजा करप.

front (n) फुडो; फुडलो भाग; मूख; □ झुजा-मांड; आघाडी; • **(adj)** मुखावयलो; मुखार आसा तो; पयलो; • **frontage (n)** (वास्तूचो) फुडलो भाग; □ रस्त्याक तेंकून, वेळेक तेंकून आशिल्ली भूंय.

frontier (n) सराद; शीम; मेर.

frontispiece (n) पुस्तकावयलें मुखचित्र; इमारतीचीं मुखावयली वट.

frost (n) धुकें; हीम; हीमतुषार.

froth (n) फेण; फेणेर; बुडबुडे; □ बास्कळ उलोवणें.

frown (v) नापसंती दाखोवप; कपलाक मिरयो, आटयो घालप; • **(n)** राग; तिडक.

frowzy (adj) (धुवंक नाशिल्ल्यान) कुजट वासाचो; कुसट्टाणीचो.

frozen (adj) गोठेल्लो; शेकेल्लो; बर्फ जाल्लो.

frugal (adj) काटकसरी; सांबाळून खर्च करपी.

fruit (n) फळ; परिणाम; पूट; □ आदाव; उत्पन्न; • **raw fruit (n)** काकाडो; धोडो.

fruition (n) फळणी; फळप्राप्ती; फळादीक जावप; येस.

frustrate (v) निराश करप; अपेशी करप; आडवारप; इबाडप; फिसकटावप; □ बेजार जावप; निर्शेवप.

fry (v) तळप; • **(n)** ल्हान वा निकतेंच जल्मल्लें नुस्तें; • **small fry (n)** नगण्य व्यक्ती; • **frying-pan (n)** तवो.

fuddled (adj) पियेवन तर्र जाल्लो; भान वगडायिल्लो; विचारशक्त वगडावन बशिल्लो.

fudge (n) एक मिठाई; चॉकलेट.

fuel (n) जळवाचें सायित्य (लाकूड, कोळसो, तेल बी).

fug (n) वारो घोळनाशिल्ल्यान जाल्लो घुसमटमार.

fugitive (adj) (संकश्टावेळार) पळ काडपी; कूस मारपी; पळपुटो; कामळीफुज्यांव; □ (कायद्याच्या बचक्यापासून) लिपून रावपी; फरारी.

fulcrum (n) तेंको; आधार; खुटी.

fulfil (v) पुराय करप; (उतराक) पाळो दिवप; (लागणूक) पाळप.

full (adj) भरिल्लो; पूर्ण; पुराय (वर्स); • **(adv)** पुराय (भरप); नीट; जिस्त.

fulminate (v) कंकासप; रागान आड्डप; उसळप.

fumble (v) हातांनी कितेंय करतना गोंदळप; घुसपप; सांसपुचें पडप; हातांनी सोदतना मेळना जावप.

fume (n) दर्पाळ धुंवर, वाफ; • **(v)** धुंवर सोडप; धुंवरी दिवप; □ रागार जावप; तिडकप.

fumigate (v) धुंवरेन जंतूंचो नाश करप.

fun (n) करमणूक; मनोरंजन; मौज-मजा; खेळ; खोस.

function (n) कार्य; कार्यक्रम; कारण; □ (यंत्राचें, कुडीचें) काम; • **(v)** (यंत्र) चलप; वावरप.

fund (n) (घो) फंड; निधी; पटी; बऱ्या कामापासत म्हणून पुंजायल्लो दुडू; • **funds (n)** खर्चाक पयशे.

fundamental (adj) मुळावो; म्हत्वाचो; आधाराचो; चड गरजेचो; बुनयादीचो; • **fundamentalist (n)** परंपरावादी.

funeral (n) (घो) फुनेराल; अंत्ययात्रा; अंत्यविधी; मरण.

fungus (n) एके जातीचें अळमें.

funnel (n) फुनेल; धुंवराळें; धुंवर वचपाची चिमणी.

fur (n) मोव ल्हंव (माजराची बी); • **furry (adj)** ल्हंवेचो; केंसाळ.

furbish (v) चकचकावप; चकचकीत करप.

furious (adj) खुबळ्ळेलो; चाळवल्लो; किंवार आयिल्लो; मोड कसो; तडाक्याचो; आवरूंक कठीण असो.

furl (v) कवळप; गुठलावप; घडी करप; धांपप.

furlong (n) (घो) फर्लांग; मैलाचो आठवो वांटो; अदमास २०१ मिटर; □ उल्याची वाट.

furlough (n) रजा; सवलत; सुटी.

furnace (n) कारखान्यांतली वा इंजिनांतली भट्टी; खोर्न; आगटें.

furnish (v) पुरवण करप; हाडून दिवप; कळीत करप; □ कुडींत फर्निचर बी मांडप.

furniture (n) (घो) फर्निचर; लाकडी सामान; □ घरवत.

furrow (n) नांगरचेली चरी; घळी; कसणी; कसतना मारिल्लें तास; • **(n)** नांगराचो फाळ.

further (adv) आनीक फुडें; • **(adj)** आनीक; • **(v)** वाडोवप; मुखार वचप; मुखार वचंक आधार दिवप.

furtive (adj) लिपचोरयांचो; गुप्तीं, नुलयत केल्लो.

fury (n) कोप; रागाचो किंवाटो; भिरभिरी; □ तडाको.

furze (n) कांटयारें झॉप; हळदुवीं फुलां आयिल्लो दाट चेव वा शेळो.

fuse (v) विरगळावप; वितळावप; (वीज) वचप; • **(n)** (घो) फ्यूझ (विजेचो); □ बॉम्ब अमक्यावेळार फुटचो म्हणून लावपाचो फ्यूझ; • **fusion (n)** एकठांय विरगळून घडिल्लो मेळ; □ मेळ.

fuselage (n) विमानाचें धड.

fuss (n) गरजेभायर केल्लो बोवाळ; गोवजी; □ भोवस्ताळे; □ हावू.

fusty (adj) घाण मारता तसलो; कुशिल्लो; कुसट्टाणीचो.

futile (adj) बेश्टो; निर्फळ; व्यर्थ; उपकारा पडनाशिल्लो.

future (n) फुडार; फुडलो काळ; येवचे दीस.

fuzzy (adj) (केंस) सामके मुदयाळे; कॉगरे; □ आकार सारको नाशिल्लो; □ अस्पश्ट.

G g

G g रोमी अक्षरमाळेचें सातवें अक्षर.

gab (n) झांक; बडबड; • **the gift of the gab** रसाळ उलोवपाचें कसब; उलयत रावपाची वज.

gabble (v) बेगीबेगीन उलोवप; गुडुगुडु उलोवप; मोट्यान गडगड वाचप.

gable (n) घराच्या पाडसामुखावयलें तिरकोनी पांखें.

gad (v) हूड कसो भोंवप; हेडप.

gadfly (n) किरट; गोरवाक लुचपी मूस.

gadget (n) कसलेंय ल्हान उपकरण.

gaffe (n) चूक; नकळटना तोंडांतल्यान भायर सरिल्लीं दुसऱ्याक दुखोवपी उतरां वा घडिल्ली करणी.

gaffer (n) म्हातारो मनीस (खासा करून गांवगारो); मुकादम; कारभारी.

gag (v) जबरदस्तीन तोंड बंद करप; तोंडाक गुड्डो मारप.

gage (n) अमानत; घाणाक दवरलेली वस्त; उतर; वायदो; बोली; • झुजाचें आव्हान; **(v)** वस्त बी घाण दवरप.

gaiety (n) खुशालकाय; धादोसकाय; मौज-मजा.

gain (v) जिखप; फायदो जावप, जोडप; • **(n)** आदाव; जीख; जैत; जोड.

gainsay (v) प्रतिवाद करप; आड उलोवप; न्हयकारप; फट म्हणून सांगप.

gait (n) चाल; चलपाचो आब; झेत; खाशेली तरा.

gala (n) उत्सव; कार्यावळ; दबाजो; सण; सुवाळो; परब.

galaxy (n) दूद-गंगा; आकाश-गंगा; नखेत्र-पुंजो; □ नांवाजत्या व्यक्तींचो जमो.

gale (n) मोड; नेटाचो वाव; □ हांशाचे पेंडके.

gall (n) पित्त (प्राण्याचें); □ झाडाचें गूंज; खरोज; कात घशटून जाल्लें चवन; □ मनाचे जाळ; • **(v)** घांसून घाय करप; □ तिडावप; सतावप; • **gall-bladder (n)** पित्ताशय.

gallant (adj) पराक्रमी; वीर; बहादूर; सभ्य; बायलांचो मान राखपी; □ (घोडो) देखणो; सुंदर.

gallery (n) (घो) गलेरी; आगाशी; पडवी; शेजो; □ चित्रसाळ; कलाभवन; प्रदर्शन मांडपाची सुवात.

galley (n) आदल्या काळचें झुजा-तारूं; पातमारी; तारवांतली रांदची कूड; □ (घो) गॅली; छापखान्यांतलें टायप मांडपाचें चौकोनी तस्त.

gallon (n) (घो) गॅलन; पातळ पदार्थ मेजचेलें माप; 4.543 लीटर.

gallop (n) घोड्यान मारिल्ली नेटाची धांव.

gallows (n) गोळ; फांस; गोळार, फांसार दिवपाची माची.

Gallup poll (n) पतीखातीर लोकमताची अदमासणी.

galore (adv) गर्शीनी; धे म्हणून; खातडीन.

galoshes (n) पावसाचे, चिखलाचे बूट.

galvanise (v) लोखणाक कलयचो लेप चडोवप (विजेच्या आधारान); (एकादऱ्या वावरापासत शक्त) एकठावप; तयार करप; प्राण फुकप.

gambit (n) बुद्धीबळांतली एक चाल.

gamble (v) जुगार खेळप; पैज लावप; वडा मारप; (जय तुमकानूय जावं येता अशी) जोखीम घेवप; • **gambler (n)** जुगारी मनीस; जुगाड्डो; खेळगी; • **gambling (n)** जुगार.

gambol (v) किटकिटप; खोशयेन उडक्यो मारप; नाचप.

game (n) खेळ; खेळाचो दाव; □ मन-रिजवण; □ भौंवडी; शिकार; काम; □ हिकमत; मांडणी.

gammon (n) दुकराचें मिठाक मारिल्लें मास.

gamut (n) सुरावट; सप्तसूर; सुराची मांडावळ; □ आवाठ; सगळीं तासां.

gang (n) कामगाराचो पंगड; □ वायट करणी करतल्यांची टोळी (गुडाची, चोराची बी).

gang plank (n) बोटीर चडपाची शिडी.

gangrene (n) (घो) गँग्रीन; कुडीचो दरदरलेलो भाग; कुसत वचपी कुडको.

gangster (n) लुटमारो; चोरांचे टोळयेचो वांगडी.

gaol, jail (n) (घो) जेल; बंदखण; कादय; • **(v)** कादयेंत घालप.

gap (n) खांच; फूट; □ अंतर; मदली मेकळी सुवात; मदलो काळ.

gape (v) आं करून पळोवप; □ जांबय काडप.

garage (n) (घो) गॅरेज; (घराकुशीन) मोटार दवरपाची कूड; मोटारी दुरुस्त करपाचो कारखानो.

garb (n) भेस; नेमण; पोशेग; आंगावलें; □ भेस; सवंग.

garbage (n) भायर उडोवपाचें उश्टें, घरांतलो कोयर; जमिल्ली घाण.

garble (v) घडलां ताचे बदला रचून दुसरेच सांगप; भडक रंगान सांगून गोंदळावप.

garden (n) बाग; पोरसू; उद्यान; • **gardener (n)** माळी; बाग, पोरसू, राखपी; मळो घालपी.

gargantuan (adj) आकाताचो; प्रचंड; भव्य; □ भकारो.

gargle (v) गळगळो घेवप; □ घोगरें उलोवप; • **(n)** गळगळो (घोंट); गुळणी.

gargoyle (n) फातर कोरातून उदक वचूंक केल्लो नळ; गायमूख.

garish (adj) गाड; भडक; लकलकीत; भपक्याचो.

garland (n) फुलांचो, पानांचो बी हार; झेलो; वळेसर; माळ.

garlic (n) लसूण.

garment (n) शिंवल्लें वस्त्र; तयार कपडो (खमीस, कालसांव बी); आंगावलें.

garner (v) पुंजावप; एकठावप; जमोवप; • **(n)** कोठी.

garnish (v) सजोवप; नेटोवप; □ खाण सजोवप; नक्षी काडप.

garter (n) मोजो, मेय घट्ट बसोवपाचें फीत, क्लीप.

gas (n) (घो) गॅस; वायू; वाफ;

□ (मोटारींत बी घालतात तें) गाजोलीन, पेट्रोल; □ रांदपाचो गॅस; • **gasoline (n)** (घो) गाजोलीन; वाहनाचें पेट्रोल • **gasometer (n)** गॅसाची टांकी; गॅस मापचेलें उपकरण.

gasket (n) (घो) गासकेट; कित्याचेंय धांपणें चप्प बसोवंक मदीं वापरपाची रबराची बी आटी.

gasp (n) दम; धांप; खरस; • **(v)** दम, धाप, खरस लागप; खरशेवप; खरशेत उलोवप; स्वासापासत घुसमटप.

gastric (adj) पोटासंबंदीत; कोठ्यासंबंदीत.

gastronomy (n) नकसूद आनी योग्य खाणाजेवणाचें शास्त्र.

gate (n) दार; दरवटो; आखाडो; □ मानशेचें बी तोंड; □ प्रवेश फी.

gather (v) एकठावप; एकठांय जमप; मेळप; जमोवप; पुंजावप; समजप; अर्थ काडप; • **gathering (n)** (घो) गॅदरींग; संमेलन; मेळ; कार्यक्रमाक जमिल्लो लोक.

gauche (adj) अन्नाडी; गांवढळ; चारचौगांत कशें चलचें तें कळनाशिल्लो.

gaudy (adj) गाड; भडक; चकचकीत; भपक्याचो.

gauge (n) (घो) गेज; मेजपाचें आवत; □ माप; प्रमाण; □ रेल्वेच्या दोन रुळांमदलें अंतर; • **(v)** मापप; मेजप; जोखप; थाव घेवप; सुमार काडप.

gaunt (adj) दुर्बळ; सुकून काश्ट जाल्लो; मरतमडक.

gauntlet (n) हाताक घालपाचें चामड्याचें वा लोखणाचें आवरण; आव्हान.

gauze (n) रसमी वा सुती जाळी; जिरजिरीत लुगट.

gavel (n) ल्हान कुटटी (न्यायाधीश वा बसकेचो अध्यक्ष वापरता ती).

gavelock (n) पारय; लवंग.

gay (adj) खुशाल; आनंदीत; प्रसन्न; उमेदी; परजळीत; □ लापीट; फोल्गी.

gaze (v) नदर लावन पळोवप; टकमक पळोवप; • **(n)** एके सुवातेर लायिल्ली नदर; करा.

gazelle (n) मेरवाभाशेन एक जनावर; चितळ.

gazette (n) (घो) गॅझेट; राजपत्र; सरकारी समाचार-पत्र (जातूंत नेमणुको, बदल्यो, सरकारी कायद्यांची बी अधिकृत म्हायती आसता); विद्यापिठाचें अधिकृत नेमाळें.

gear (n) (घो) गियर; यंत्राची गती नियंत्रीत करपी चक्र; □ घोड्याचो बी साज; □ घरवत, आवतां बी सामुग्री; • **gear up (v)** वेग वाडोवप.

gecko (n) एके जातीची पाल.

gel (n) (घो) जेल; जाचे थेंब गळनात असो दाट जिनस.

gelatine (n) (घो) जिलेटीन; सरस; जॅली करपाचो पिठो; • **blasting gelatine (n)** सुरींग पेटोवपाचो, स्फोट घडोवन हाडपाचो पदार्थ.

gem (n) तासांचो खडो; रत्न; □ मोलादीक वस्त; □ बेस बरो मनीस; • **gemmology (n)** रत्नविद्या.

Gemini (n) मिथुन रास.

gender (n) लिंग.

genealogy (n) वंशावळ; वंशवृक्ष; वंशपरंपरा; □ (प्राणी वा वनस्पतीचो) विकासक्रम.

general (adj) सामान्य; सर्वसाधारण; तपशील ना असो; □ मुखेल; • (घो) जनरल; सेनापती; • **generalissimo (n)** सरसेनापती; • **general election (n)** सार्वत्रिक वेंचणूक; • **general knowledge (n)** सामान्य गिन्यान; •

general public (n) सामान्य जनता; • **general merchant (n)** चालंत व्यापारी (चालंत म्हालाचें दुकान); • **generally (adv)** चड करून; साधारणपणान; जायतेदां.

generate (v) (प्राणी; वनस्पत बी) जल्मा हाडप; • (गॅस, वायू) उत्पादन करप; (राग, दुवेस) उत्पन्न करप; □ (परिणाम) जावप.

generation (n) उत्पत्ती; जल्म; निर्माण; उत्पादन; □ पिळगी; पिढी; □ एका युगांतले वा काळांतले लोक; तिसेक वर्सांचो काळ.

generator (n) (घो) जनरेटर; वीज निर्माण करपी यंत्र; जनित्र.

generic (adj) एका वर्गांतल्या वस्तूमदींत (फर्निचर : मेज, कदेल बी).

generous (adj) वड मनाचो; उदार; सुवार्थ नाशिल्लो.

genesis (n) आरंभ; उत्पत्ती; मूळ; जनन.

genetics (n) वंशावळीचो अभ्यास; वंशशास्त्र.

genial (adj) उदरगतीक, विकासाक पुश्टी दिवपी; हासऱ्या मुखाचो; उमेदी (व्यक्ती); □ (हवा) शितळ; सुखदिणी; बरी.

genie (n) जीन (अरबी काणयांनी हो चमत्कार बी करता).

genitive (adj) संबंदकारक; मालकी दाखोवपी खूण वा उतर.

genius (n) (घो) जिनियस; लोकोत्तर, प्रतिभासंपन्न व्यक्ती; असामान्य बुदशेची व्यक्ती.

genocide (n) वंशहत्या; मुजरत केल्लो जातीसांवार.

genre (n) तरा; मोड.

gent (n) सभ्य मनीस.

genteel (adj) देखाव्यांचो (चड सुसंस्कृत जाल्ले भाशेन बी); □ बाब वर्गातलो.

gentle (adj) बरो (मनीस); प्रामाणिक; दयाळ; नमळायचो; शीळवंत; कोमल; मृदू; □ कुळवंत; मानेस्त.

gentleman (n) सज्जन.

gentry (n) घवाडो.

genuine (adj) निजाचो; अस्सल; खरो; बरे जातीचो.

genus (n) पत; जात; वर्ण.

geography (n) भूगोल; भूगोलशास्त्र; □ एकादऱ्या प्रदेशाची भूगोलीक म्हायती; वळख.

geology (n) भूरचनाशास्त्र; भूविज्ञान; • **geologist (n)** भूशास्त्रज्ञ.

geometry (n) भूमिती; भूमापनशास्त्र; रेखागणीत.

geriatrics (n) म्हातारपण आनी म्हातारपणातल्या पिडांची चिकित्सा आनी उपाय.

germ (n) (पिडा पातळावपी) बारीक जीव, जंतू; □ कोंब; आकूर; मूळ; • **germicide (n)** जंतू नश्ट करपी वखद; जंतूनाशक.

germinate (v) किल्लप; कोंबेवप; फुटून भायर येवप.

gestation (n) गर्भावस्था; गुरवचार.

gesticulate (v) हातवारे करप; हावभावांनी सांगप.

gesture (n) संकेत; हातवारे; इशारत; हावभाव; (आगापांगाचो) मोड; कृती.

get (v) मेळोवप; हाडप; घेवप; पावप; जावप; वचप; (काम करून) घेवप.

get-together (n) इश्टमित्रांचें एकठांय जमप; मेळपाची लहान कार्यावळ.

get out, get lost (int) लाग चलूंक! भायरो जा!

get-up (n) बांदावळ; घडण; रचणूक;

भायलें रूप.

geyser (n) (घो) गिझर; उदक तापोवचेलें विजेचें उपकरण वा आयदन.

ghastly (adj) भिरांकूळ; कांपरें भरसारको; आकांताचो.

gherkin (n) एक फळ (हाचें लोणचें बी करतात).

ghost (n) भूत; □ भास; सावळी.

ghoul (n) राकेस; मृत कुडीचें मांस खावन जियेवपी पिशाच्च (काणयांतलें); □ पोजड्या संवयांचो मनीस; विकृत व्यक्ती.

giant (n) मनीस कसो पूण कुडीन अगडबंब व्यक्ती (कल्पीत, पुराणांतली बी); (काणयांतलो) राकेस; दैत्य; □ असामान्य गुणांची व्यक्ती.

gibber (v) पुटपुटप; तोंडांतल्या तोंडांत बडबडप; बेगीबेगीन अस्पश्ट उलोवप; कित्याकितेंय बडबडप; • **(n)** बास्कळ बडबड.

gibbet (n) गोळ; फांशी दिवपाचें तिकटें; वधस्तंभ; • **(v)** गोळार हुमकळावन मारप; फांसार चडोवप; हुमकळायत दवरप.

gibbon (n) मनीस कसो (शेंपडी नाशिल्लो) लांब हातांचो एक वानर.

gibe (v) भगलो मारप; फकाणां करप; तावल्यो-बावल्यो करून दुसऱ्याक दुखोवप; खेबडायो करप.

giddiness (n) घुंवळ; चिनारी; गिरगीर; • **giddy (adj)** जाका घुंवळ येता, तकली गिरगिरता असो; □ चंचल; वर्तनान धील; फोल्गी.

gift (n) भेट-वस्त; भेटवण; अहेर; पागण; मनशाच्या आंगांतली प्रतिभा; • **gifted (adj)** गुणी; प्रतिभाशाली; बुदवंत.

gig (n) घोड्यांची दोन चक्रांची गाडी; □ पनेळ; □ भालो.

gigantic (adj) खूब मोटो; आकांताचो (आकारान).

giggle (v) ओगीच हांसप; किटकिटप; ही ही करप; • **(n)** किटकिटो; आडावंक जमनाशिल्लो हांसो.

gild (v) भांगराचो वर्ख चडोवप; सोनेरी रंग दिवप; • **gild the lily** जें मुळांत सुंदर आसा तें भडक करप.

gill (n) नुस्त्याचें बी गळपूट; स्वास घेवपाचो अवयव; □ मनशाचीं दाडवणां आनी कानासकयलें मांस; □ कोंब्याच्या गळ्यापोंदचें हुमकळटें मांस.

gilt (adj) पातळसो सोनेरी वर्ख दिल्ली (वस्त); भांगरा रंगाची; • **gilt-edged (adj)** शंबर नुम्री; जी केन्नाच बुडची ना अशी (हुंडी).

gimlet (n) गिरमीट; गिरबो; तोपण.

gin (n) (घो) जीन; सोऱ्याचो एक प्रकार; □ कापसाच्यो गुठयो वेगळ्यो काडपाचें उपकरण.

ginger (n) आलें; सूंठ; □ त्राण; उमेद.

gipsy (n) (घो) जिप्सी; भोंवन पोट भरपी जमातीचो वांगडी.

giraffe (n) एक जनावर; जिराफ.

gird (v) आंगार चडोवप (तरसाद बी).

girder (n) लोखणाची पाटी (पुलांक, पाश्टांक बी वापरपाची).

girdle (n) कमराभोंवतणी बांदिल्लो पटो; बायलांचो कमरपटो; कमरबंद; रेवडावपाची वस्त; काण.

girl (n) चली भुरगें; चली; चेडूं; बाय.

girth (n) घोड्याक बांदिल्लें काण; □ घेर; फेरो; कक्षा.

gist (n) सार; मुद्दो; गरोप.

give (v) दिवप; अर्पण करप; ओंपप; पावोवप; मानप; सादर करप; • **give up (v)** प्रयत्न सोडप; • **give in (v)** हार मानप; बाग घेवप; उपाय नासून

दिमी मारप.

glacier (n) हीमनदी; बर्फाचो हळुहळू व्हांवतो व्हड पाट.

glad (adj) आनंदीत; खुशाल; खोशी; प्रसन्न.

glade (n) रानांतली मेकळी उकती सुवात.

gladiator (n) खांपो झुजारी (आदल्या काळार राजा लोक हा झुजाऱ्यांक रानवटी सावदां वांगडा झुजयताले).

glamour (n) (तायणेंत घालपी वयलेचाराचो) चकचक, लकलक; □ सुंदर वस्त्रां आनी थातो-मातो करून सजगयल्लें रूप; • **glamorous (adj)** मनभुलयणो; ओडलायणो; खूब सुंदर.

glance (n) (कित्याकूय घाल्ली) उडटी, उखलापी नदर; • **(v)** वयलेवयर पळोवप.

gland (n) मांसाची गांठ; गूठ; ग्रंथी.

glare (n) दिपकावपी खर उजवाड; झगझग; दिमी; □ रखरख; तीख नदर; कठा; • **(v)** झगझगप; □ तीख नदरेन पळोवप.

glass (n) (घो) ग्लास; कंचची; हारमो; कप; कंचचेचें आयदन; • **glasses (n)** चश्मो; ओक्त; ओक्लाचे हारशे.

glaze (v) जनेलाक, इमारतींक वी हारशे लावप; मातयेच्यो वस्तू हारशे लावन सोबीत करप; कपडे वी हारशाभाशेन चकचकावप; कित्याचोय तळ हारशाभाशेन चकचकीत करप; • **glazing (n)** चकचकसाण.

gleam (n) उजवाडाचो अंधूक लिकलीक; □ आशेची तिरपी; उमेदीची फांक.

glean (v) लुवन धान्य व्हेले उपरांत उरिल्लें इल्लें-इल्लें पुंजावप; □ बातम्यो पुंजावप; खबरो काडप.

glee (n) मनातली आडावं नज अशी खोस; खोशये-उमाळो.

glen (n) दोंगरांमदली अशीर घळ; दरी.

glib (adj) बोलको; उलोवंक लापीट; बातयो; उथळ.

glide (v) अचळय, अळंग वचप; बदल जावप; आपमूक आडखळीविणें धोलप; नाचप; उफेवप; (उदकाचें) नितळ व्हांवप; फुडें सरप; • **glider (n)** यंत्र नाशिल्लें अंतराळयान.

glimmer (n) अंधूक उजवाड; (आशेची) तिरपी; • **(v)** मिणमिणप.

glimpse (n) उडटी नदर; झलक; • **(v)** उडटी नदर घालप.

glint (n) चकचकसाण; तिकतिकसाण; चकचक; झगझग; केण; दिप्ती.

glisten (v) लिकलिकप (कातीवयलो घाम वी).

glitter (v) चकचकप; झगझगप (माणकांचें, हिऱ्यांचें वी); • **sparkling glitter (n)** झिगझीग.

gloat (v) (दुसऱ्याचे वायट दशेचेर) विकृत खोस भोगप.

global (adj) पृथ्वीसंबंदीत; जगासंबंदीत; संवसारीक; • **globe (n)** पृथ्वी; पृथ्वीगोल; • **global war (n)** संवसारभर पेटिल्लें झूज; • **globular (adj)** वाटकुळो.

gloom (n) दुस्खाचें सावट; काळखाची पसय; निर्शेवणी.

glorify (v) न्हान गजालीक व्हडवीक दिवप; मुजरत गूण, तुस्त गावप; • **glorious (adj)** कीर्तवंत; नांवारुपाचो; तेजवंत; जैतवंत; • **glory (n)** येस; जैत; कीर्त; व्हडवीक.

gloss (n) ओप; चकचकसाण; टुळटुळसाण; तिकतिकसाण; □ तळटीप; चत्राय; • **to gloss over** चुकीर धांपणें घालप; • **glossy (adj)** तिकतिकीत; टुळटुळीत.

glossary (n) उतरावळ; अर्थासयत उतरावळ.

glottis (n) कंठ; स्वासनळयेचें मूख.

glove (n) हातमोजो.

glow (n) उजवाडाची पसय; फांक; झिगझीग; दिप्ती; • **(v)** काजुल्याभाशेन, इंगळ्याभाशेन झिगझिगप.

glower (v) रागान पळोवप; तापोवप; धेंक घालप.

glucose (n) (घो) ग्लुकोज; फळांतली साखर.

glue (n) गोम; पांक; खळ; सरस; • **(v)** दसप; दसोवप; दसून रावप; चिकटप; चिकटावप.

glum (adj) उदास; दुर्मुखी; दुख्खी; निर्शेणेचे सयेचो.

glut (v) पोट फुटसर खावप; भकप; □ चड प्रमाणांत पुरवण करप; खातड जावप; • **(n)** खातड (बांगड्यांची बी).

glutinous (adj) चिकट; पांकट; दसपी.

glutton (n) भकारो; कितेंय अती करपी; • **gluttony (n)** भक; वसवस.

glycerin (n) (घो) ग्लिसेरीन (हाचो वखदां आनी प्रसाधनां करूंक उपेग करतात).

gnarled (adj) पोरण्या रुखाभाशेन गूंजट; धोंगापोंगांचो तसो वांकडो तिकडो.

gnash (v) रागान दांत करकरावप.

gnat (n) सामको बारीक रगत लुचपी जीव; हुलूक बी.

gnaw (v) दांतांनी चाबडावप वा जिबेन चगळप (सुणें हाड चगळटा तशें).

gnome (n) आदल्या काणयांतलो एक जड्डो तसो गिड्डो, जो धतरेपोंदा रावन पुरिल्ल्या धनाची राखण करता.

go (v) चलप; भोंवप; फुडें सरप; वचप (देखीक: हें इनाम भुरग्याक गेलां; हो रस्तो पणजे वता; तो मनीस बाजारांत वता; ही वंय हांगाची वचूंक जाय; म्हजें पाकीट गेलें; ती घडयाळ चलना; वेळ मौजेन गेलो; हांगा कितेंय चलता, खपता); • **(n)** प्रयत्न; उमेद (फुडें सरपाची).

goad (v) तिडावन कृती करूंक लावप; चिथावप; आमडप; • **(n)** बैलांक, गोरवांक आमुडपाची शिट्टी.

goal (n) (घो) (खेळांत मारतात तो) गोल; □ हेतू; ध्येय; मोख; साध्य; • **goalkeeper (n)** गोलकी.

goat (n) बोकड.

gobble (v)चॅकचॅक करून गिळप; वसवस सुटिल्लेवरी खावप.

go-between (n) मदेस्त; दलाल.

goblet (n) पियेवपाचें कडांचें आयदन, पेलो वा वाटो.

go-cart (n) बाबागाडी.

god (n) देव; ईश्वर; परमेश्वर; • **goddess (n)** देवता; देवी; • **godfather (n)** धर्मपिता; पदोन; • **godmother (n)** धर्ममाता; मदोन; • **godly (adj)** देवमनीस कसो; धर्मीक सभावाचो.

godown (n) म्हालाची कोठी; गुदांव; गुदाम.

goggle (v) अजापान दोळे विस्फारप; • **goggles (n)** (घो) गॉगल; वताचो चश्मो.

goings on (n) घडामोडी; • विक्षिप्त चलणूक.

gold (n) भांगर; सुवर्ण; • सोनेरी रंग; • **goldsmith (n)** शेट; सुवर्णकार; वस्ती, दागिने करपी.

golf (n) (घो) गोल्फ; एक खेळ.

gong (n) थाळयेच्या आकाराचो बडयेन वाजोवपाचो एक वाद्यप्रकार.

good (adj) बरो; बऱ्या गुणांचो; फावोसो; आदावाचो; उपेगाचो; खरो; निर्मळ; • बरें; कल्याण; हीत; लाव; बरेपण; •

good for nothing (n) कित्याक उपकरना असलो; वेंगळ; गुळगुळपंचांग.

goods (n) म्हाल; सामान; वस्तू.

goodwill (n) सद्भाव; बरेपण; □ व्यापार-धंद्यांत जोडिल्लें नांव; व्यापारी नांवाचें मोल.

googly (n) (घो) गुगली; क्रिकेटींत बोलरान एके दिशेन घाल्लो दुसरे दिशेन वतलो पेल्ल.

goose (n) बदक; हांयस; □ मूर्ख मनीस.

gore (n) सत्रेवयलो लुगटाचो तिरकोणी भाग; □ सांडून किणेल्ले रगत; • **(v)** शींग मारप, तोपप; मुळो तोपप; • **gory (adj)** रगतान माखिल्लो; भिराकूळ.

gorge (n) गळ्याभितल्लो भाग; कोठ्यामेरेन वचपी सकनळी; □ दोन दोंगरांमदलो चर (दरी); • **(v)** भकप; वसवशिल्लेवरी खावप; जाय ताचेपरस चड रगडप.

gorgeous (adj) गाड; भडक; □ सोबीत; नदरेत भरसारको; आनंदीत करपी; □ (उलोवपाची तरा) अलंकारीक; गोड.

gorget (n) (आदल्या काळचें) गळ्याभोंवतणचे कवच; □ बायलांचो घुगट; □ किराचो बी रंगीत कंठ.

gorilla (n) (घो) गोरिला; वानराची मनशाभाशेन दिसपी एक जात.

gospel (n) जेजू क्रिस्ताचें जिवीत आनी ताची शिकवण; शुभ-वर्तमान.

gossamer (n) मावलेचें जाळें (हाचेपासून रसमी धागो काडटात); कसलीय साप्प पातळ वस्त.

gossip (n) धवळे; चाडयो; □ लुतुफुतू गजालो; भिकारभासो; • **(v)** हेराच्या व्यक्तीगत जिविताचेर गजाली करप; धवळे करप.

gothic (adj) (घो) गॉथीक; घुमटेचे आकृतायेचो.

gouge (n) चित्रें (लाकूड कोरांतपाचें).

gourd (n) दुदयाभाशेन एक फळ (हाचें कट्टें सुकोवन कंमडळू, रेंदराचें दुदकें बी करतात); • **bitter gourd (n)** कारथें.

gourmand (adj) भकारो; वसवसो.

gourmet (n) जेवणाचो आनी सोऱ्याचो पारखी.

gout (n) सांदे, पेरां दुखपाची, धरपाची पिडा; कसकस; □ रगताचो थेंब; खत.

govern (v) राज्य करप; सरकार चलोवप; सत्ता राबोवप; संचालन करप; प्रभावीत करप; • **governing body (n)** संचालन समिती; कार्यकारिणी; • **government (n)** सरकार; राजवट; राज्यकारभार चलोवपी यंत्रणा; • **governor (n)** राज्यपाल; • **governess (n)** भुरग्यांक सांबाळूंक आनी देख दिवंक नेमिल्ली बायलमनीस.

gown (n) (घो) गावून; लोब; चोगो; □ न्यायाधीश, पाद्री, बायलो बी घालतात तें लांब वस्त्र.

grab (v) झोपून घेवप; बळान हातासप; ओढून काडप.

grabble (v) सांसपून सोदप; सोदप.

grace (n) कृपा; देवाची कृपा; उपकार; बेंसांव; □ अर्गा; प्रार्थना; मागणें; □ शिरी; कांत; □ उलोवपा चलपांतली सोबिताय; लालित्य; लावण्य; □ सवलत; उसर्पत; • **(v)** कृपा करप; सोबा वाडोवप; सोबा हाडप.

gracious (adj) कृपाळ; दयाळ; मोगाळ; गुणेस्त; गोडयेन वागपी.

gradate (v) वर्गवारी करप; पतीप्रमाण लावप.

grade (n) पांवडो; क्रम; पत; • **(v)** पांवड्या प्रमाण वा बरे-वायट पती प्रमाण जिनस वेगळो करप.

gradual (adj) ल्हवुल्हवू जावपी; सवकास-सवकास फुडें सरपी; एकदम वचना असो.

graduate (n) पदवीधर; विश्वविद्यालयाची पदवी जोडल्या तो; • **(v)** विश्वविद्यालयाची पदवी जोडप; हळुहळू फुडें सरप; वयर सरप.

graft (n) गार्फ; कलम; □ राजकारणांत वा व्यापार-धंद्यांत आडमार्गान जोडिल्ले पयशे; लांच; • **(v)** (आंब्याचें) गार्फ लावप; एकेकडली कात काडून दुसरेकडेन लावप; • लांच घेवप वा दिवप.

grain (n) धान्याचो दाणो; बोय; कण; • **grain dealer (n)** धान्याचो, भुसारी म्हालाचो व्यापारी.

gram (n) चणो; कड्डण; □ घोड्याक खावपाक घालपाचें धान्य; □ एक माप.

grammar (n) व्याकरण; व्याकरणशास्त्र; • **grammarian (n)** व्याकरणकार; भाशाकार.

gramme (n) एक माप; ग्राम.

gramophone (n) (घो) ग्रामोफोन.

granary (n) धान्य दवरपाची व्हड कोठी; व्हडलो गुदांव.

grand (adj) भव्य; दबाजीक; मोठ्या थाटाचो; म्हान; बेस बरो; चड सोबीत.

grandchild (n) नात वा नातू; • **grandson (n)** नातू; • **grand-daughter (n)** नात; • **grandfather (n)** आजो; • **grandmother (n)** आजी; • **grandparent (n)** आजो वा आजी.

grandeur (n) आब; वैभव; व्हडवीक; दबाजो; म्हयमा.

grandiose (adj) अगडबंब (येवजण्यो); व्हडल्योव्हडल्यो; आटापान व्हड.

grandstand (n) खेळां-मळ (आनी भोंवतणचीं बसकांची सपणां).

granite (n) मार्गाखातीर खडी करतात तें तळप.

grant (v) मान्यताय दिवप; दिवप, मानप (सांगिल्लें खरें धरप); • **(n)** अनुदान; खाशेल्या वावरापासत सरकारान वा संस्थेन दिल्ली देणगी.

granulate (v) कणयो करप; • **granule (n)** (रेंवेचो बी) कण; कणी.

grape (n) दाकू; द्राक्ष; • **grapery (n)** दाकूंचो मळो; • **grapevine (n)** दाकूंची वाल; • **(n)** फाकायो वा हुली; लोकांतलो चर्चेचो विशय.

graph (n) (घो) ग्राफ; आलेख; परिस्थितींतलो वा गजालींचो संबंद दाखोवंक कागदार आंखिल्ली ओळ (वा ओळी); • **graphic (adj)** आलेख काडून दाखयल्लो; □ स्पश्ट; जसो घडलो तसो (प्रसंग).

graphite (n) शिशें; लाप्सांत आसता तो धातू (काडी).

grapnel (n) बोटीचो नांगर; तारू आडावपाचो गरो; आंकडो.

grapple (n) गरो; कांटो; • **(v)** (गऱ्याभाशेन) फारावन धरप; लटाफट करून घट्ट धरप (चोराक बी); □ कठीण प्रस्न बुद्दीन झुजून सोडोवप.

grasp (v) बचक्यांत वा वेंग मारून घट्ट धरप; संद घट्ट धरप (फायदो घेवप); समजप; समजुपाचो प्रयत्न करप; • **(n)** बचको; ताबो; समजुपाची तांक.

grass (n) तण; गोरवांची पालय; भातयेण बी; • **pile of grass (n)** तणाचें गुडवें; • **grasshopper (n)** पाचवो तोळ; पांखटां हालोवन शिटी मारिल्ले भाशेन आवाज काडपी जीव.

grate (v) कांतप; किसप; खरवडप; □

कोलावप; तिडावप; • (n) रांदनीवयली लोखणी जाळी.

grateful (adj) आभारी; उपकारी; दिनवाशी.

gratified (adj) समाधानी; दिनवाशी; • **gratify** (v) इत्सा भागोवप; खोशी करप, जावप; तृप्त करप.

gratis (adv) फुकट; फुक्याचो.

gratitude (n) आभार; कृतज्ञताय; उपकार.

gratuity (n) केल्ल्या वावरापासत अदिकतराची, वर्चील तसरीप.

grave (adj) म्हत्वाचो (निर्णय वी); भारदस्त; गंभीर; भयंकर; दुस्वदिणो; • (n) मेल्ल्यो कूड पुरपाचें ठिकाण वा फॉड; सिमितेर; कबर; • **grave digger** (n) फॉड मारपी; पेदो; • **grave** (v) (मनार वी) पुसना तमलो छाप उमटावप; • तारवाचो तळ निवळ करप; • **gravity** (n) गंभीरताय; जडाय; □ गुरुत्वाकर्शण शक्त; वस्तू पृथ्वीचेरेन ओडून जमनीर पडप.

gravel (n) कंकरी, शेंक्रो वी; • (n) मुतखड्यो.

gravy (n) (घो) ग्रेवी; पोळोंव; खळ; मेथो.

gray (adj) पळयात **grey**.

graze (v) (गोरवानें) चरप; चरपाक मोडप; □ घसटून वचप.

grease (n) (घो) गीज; वस; चरबी; यंत्राच्या चक्राक वी घालपाचो दाट तेलकट जिनस.

great (adj) व्हड; मोटो; म्हान; धीर; नाबाजतो; हुशार; □□ चड; • **greatness** (n) व्हडपण; व्हडवीक; • **great grandchild** (n) पणटू; पणटू वा पणटी.

greed (n) सोस; आस; आशादोशीपण; वसवस; आपमुवार्थ; • **greedy** (adj) आशेभगत; वसवसो.

green (adj) पाचवो; □ हरवो; धोडको (पिकूंक ना ह्या अर्थान); □ नवो; □ तरणो; □ अणभव नाशिल्लो; • **greenery** (n) वनस्पत; पाचवीचार भूंय; □ शाकभाजी; • **greengrocer** (n) पालेभाजी फळां वी विकपी; • **greens** (n) पालेभाजयो; • **green gram** (n) मूग.

greet (v) येतल्याचें वा मेळटल्याचें (उतगनी) स्वागत करप; येवकार दिवप; नमस्कार करप; सलाम करप; □ प्रतिक्रिया व्यक्त करप; • **greeting** (n) स्वागताचें, येवकाराचें उल्लोवप वा उतरां; • **greetings** (n) परबीं; अभिनंदनाचो संदेश वा उतरां; शुभेच्छा.

gregarious (adj) चारचौगांत रमपी; चौगातलो; □ हिंडांत वा भिऱ्यांत रावपी (प्राणी).

grenade (n) न्हान बॉंब; हातांनी शेवटुपाचो बॉंबगुळो.

grey, gray (adj) धवसार-काळसार; गोबरो.

greyhound (n) भोंवडेक (कासाक, शिकारेक) व्हरपाचें सुणें.

grid (n) नकाशांतल्यो संदर्भाच्यो उब्यो-आडव्यो ओळी; □ लोखणी वारांवांची जाळी; □□ विजेच्या सरयांचें, गॅस पायपाचें वी जाळें.

grief (n) चड दुस्ख; खंत.

grievance (n) तक्रारीचें, कागाळीफाटलें कारण; तक्रार.

grieve (v) दुखोवप; कश्टावप; मनस्ताप दिवप; जावप; • **grievous** (adj) गंभीर (दुखापत); सोंमू नज असो (घाय).

grill (v) तव्यार तळप; भाजप; □ खर तपासणी करप; झडटी घेवप; • (n) भाजपाचो तवो वा जाळी.

grim (adj) भयंकर; बंदी घाल्लें,

हळशिकावणें (काम); □ रागिश्ट; क्रूर; □ हटी; हद्देक पेटिल्लो.

grin (v) वाळवो पेंचून हांसप; • (n) तोंडावयलो मनमेकळो हांसो.

grind (v) दळप; □ भड्डप; □ (सुरयेक बी) धार काडप; □ घरघर आवाज जावप; • (n) वाज हाडपी काम; • **grinder** (n) दळपाचें, पिठो करपाचें यंत्र वा दळपाचें काम करपी व्यक्ती; • **grindstone** (n) साण; धार काडपा फातर; • **grinding stone** (n) दांत्याची पाव, फातर.

grip (n) बचको; चिमटो; (घट्ट धरिल्ल्यान मेळिल्लो) ताबो; □ समजणी; समजाविशी; • (v) मुठींत घट्ट धरप; ताबो आसप.

grisly (adj) भयांकृत.

grist (n) दळपाचें धान्य.

grit (n) फातराचो कण; रेंवेचो कण; □ धाडस; धिटाय; वृत्तीची कणखरताय; • (v) दांत घट्ट दामून धरप (रडपाक बी येवचें न्हय म्हणून).

groan (v) पिरंगप; परवंप; विवळून आवाज काडप; □ किळांचप; विकळापप.

grocer (n) पसरकार; भुसारी म्हालाचो व्यापारी.

groggy (adj) दुर्बळ; कडकडत चलपी.

groin (n) मांडी आनी कुडीचो वयलो भाग जोडपी सांदो.

groom (n) घोड्यांची वेवस्था पळोवपी मनीस; • (v) (शिकप बी दिवन) तयार करप; तयारी करप.

groove (n) खांच; चर.

grope (v) (काळखांत, धुंवरांत) हातांनी सांसपप; सोदप.

gross (adj) सामको वायट; बाद; उणाक; □ आंगान चड मोटो; □ सगलो; पुराय; एकांदर; ढोबळ; □ नग बारा डझन.

grotesque (adj) दिसूंक विक्षिप्त; हांसपासारको; विचित्र; □ अर्दो मनीस अर्दें जनावर अशे आकृतायेचो.

grouch (v) किरकिरप; पिरंगप; • (adj) पिरंगणो; • (n) पिरंगण्या-सवंग; □ तक्रार.

ground (n) जमीन; भूंय; □ जमनीचो कुडको; मळ; मैदान; • पोंदचो भाग; आधार; • (v) आधारप; □ (बोट बी) मुंगरप; (विमान बी) उडनासतना भुंयेर उरप वा देंवोवप; • **ground floor** (n) तळमजलो; • **groundless** (adj) बुनयाद वा आधार नाशिल्लो; घटसाण नाशिल्लो (मुद्दो); **ground-nut** (n) मस्मी-भिकण; भुंयमूग; • **groundwork** (n) मुळावें काम; • **grounds** (n) फातरा-कण; □ योग्य कारण.

group (n) जमो; पुंजो; चोमो; पंगड; पुंजुलो; • (v) एकवटप; एकठावप; एकठांय जमप; पंगड करप.

grouse (n) तक्रार; कागाळ; • (v) तक्रार करप; कागाळ करप.

grout (n) खांच भरपाक रेंव आनी शिमिटाची पातळ भरस; • (v) अशी भरस खांचींत भरप.

grove (n) फळबाग; कुळागर; ठिकाण; बागायत.

grovel (v) हातापांयां पडप; लोटांगण घालप.

grow (v) पिकप; पिकोवप; उपजप; वाडप; वाडोवप; पुटाक येवप; (व्हड) जावप; (रात) जावप; बदल घडप; • **growth** (n) उदरगत; विकास; तरतर; □ बरे वा वायट गजालीची वाड.

growl (v) गुरगुरप (सुण्याचें, वागाचें बी) • (n) गुरगूर.

grub (n) तांतयांतल्यान भायर आयिल्लो किडो (उडचे पयलींचो); खावड; ग्रास; • (v) (जमीन) बोंचावप; उस्तप; निवळ

करप.

grubby (adj) दुरसो; म्हेळो; हळशिकावणो.

grudge (v) दिवंक, करूंक अनमनप; पिरंजळत करप; नसाय दिसप; • **(n)** दुर्येसाची भावना; तिडक.

gruel (n) निवळ; नीस; पेज; आमील; • **(v)** पुरो करप; खरस हाडप; ख्यास्त लावप; • **gruelling (adj)** नाका-पुरो करपी; खरसावपी; प्राण कंठाकडेन हाडपी.

gruesome (adj) भयांकृत (देखावो).

gruff (adj) कर्कश; घोगरो; रुक्ष; तुमडो; उर्मट.

grumble (v) फडफडप; पिरंजळप; शिणप; तापप.

grumpy (adj) तापपी; तिडकुपी (व्यक्ती).

grunt (v) दुकराचें घुरघुरप; लहान कर्कश घोगरो आवाज करप.

guarantee (n) (घो) गॅरंटी; हमी; विस्वास; धाकाय; खात्री; • **(v)** हमी देवप; खात्री दिवप.

guard (v) संकश्टापासून वा घुरेपासून राखण दिवप; (बदखणीतल्या बंद्याचेर बी) नदर दवरप; राखप; सादर रावप; • **(n)** (घो) गार्ड; राखणदार; रेल्वेचो गार्ड.

guardian (n) पालक; राखण दिवपी; आचय-बापूय नाशिल्ल्या भुरग्याचो सांबाळ करपी.

guava (n) पेराभाशेन एक फळ; पेर.

guerilla (n) लिपून रावन दुस्मानाचेर अचकीत घुरी घालपी शूजारी पंगड.

guess (v) अदमास करप; अदमासान सांगप; • **(n)** अदमास; सुमार; तर्क.

guest (n) सावरो; आमंत्रणान (जेवंक) येवपी मनीस; □ हॉटेलांत रावपी मनीस.

guffaw (n) हांशाचो खळखळ.

guidance (n) मार्गदर्शन; सल्लो; फुडारपण; • **guide (v)** मार्गदर्शन करप; वाट दाखोवप; सल्लो दिवप; नियंत्रण दवरप; • **(n)** (घो) गायड; वाटेली; वाट दाखोवपी; म्हायती दिवपी मनीस; अभ्यासाच्या पुस्तकाचो 'गायड'; अभ्यासांत, संशोधन करतना बी मार्गदर्शन करपी.

guild (n) संघटन; व्यापाऱ्यांचो, कारखानदारांचो एकवट.

guilder (n) नॅदरलँड देशाचें चलन.

guile (n) फटोवपाची कळाशी; कवन; तड्डक; कपट; • **guileless (adj)** प्रामाणिक; उजू; विस्वासू.

guillotine (n) (घो) गिलोटीन; मरणाची ख्यास्त जाल्या ताची गोमटी कातरपाचें साधन (फ्रान्स देशांतलें); □ फोली कातरपाचें यंत्र (छापखान्यांतलें); □ (विधानसभेंतली बी) चर्चा लहान करपाचो एक खर नेम.

guilt (n) लजेची, अपराधाची, चूक केल्ल्याची भावना; चूक; दोश; गुन्यांव; • **guilty (adj)** गुन्यावगार; वांकडी करणी करपी; दोशी; अपराधी; चूक केल्ल्याचे भावनेन लजेक पडिल्लो.

guinea-pig (n) प्रयोग करूंक पोशिल्लो हुंदराभाशेन वा सोंशाभाशेन एक प्राणी; □ आपल्या कामापासत वापरचेलो मनीस; बळी दिवपाचो बोकड.

guise (n) भेस; सवंग; रुपडें.

guitar (n) (घो) गितार; एक तंतूवाद्य (हाका चड करून स सरयो आसतात).

gulf (n) खाडी; आखात; □ मोटो चर; □ व्हड अंतर.

gull, seagull (n) दयदिगेर जियेवपी गोबऱ्या रंगाचो, रुंद पांखांचो आनी पसरट दोंक्यांचो एक पक्षी.

gullet (n) ताळो; सकनळी; अन्न कोठ्यांत वचपाची वाट.

gullible (adj) सोंपेपणान फटोवं येत असो; सादो-भावार्थी.

gulp (v) आंयडो गिळप; बेगीबेगीन चाबनासतना गिळप.

gum (n) दांतांभोंवतणचें मांस; हड्डी; □ पांक; खळ; गोम; दीख; • **chewing gum (n)** रबर कशी एक चॉकलेट; • **gumboil (n)** फोफूड; हड्ड्यांक आयिल्ली सूज.

gum-boots (n) (घो) गमबूट; पावसांत वापरपाचे धोंपरामेरेनचे रबराचे बूट.

gun (n) आर्म; गन; □ बंदूक; तुबक; • **(v)** फार मारप.

gurgle (n) उथळ उदकाचो खळखळ; खळखळ आवाज.

gush (n) उदकाचो लोट; • **(v)** लोटान व्हांवप; झोत व्हांवप; □ थार घेनासतना गळगळून उलोवप.

gust (n) अचकीत नेटान आयिल्लो वाऱ्याचो झोत; पावसाचो शिवर; □ उज्याचो भगभग; रागाचो ओग, किंवाटो.

gusto (n) मोटी उमेद; उर्बा; आवड; रूच.

gut (v) जनावरांचीं आंतां बी काडप; नुस्त्याचें, कोंबयेचें पोटकळ काडप; उज्याचे भकीक पडप; • **(n)** आंतकड्यो; • **guts (n)** कसलेय वस्तूचो भितल्लो भाग; सार; • **to have guts (v)** धाडस जावप, करप.

gutter (n) गटार; रस्त्याकुशींतली खळी; घाण उदकाचो तूंब; कोयर, हळशीक उडोवपाची सुवात.

guttural (adj) कंठस्थ; गळयां वा जिबेच्या मुळांतल्यान उच्चारिल्लो (अ, क, ख, ग, घ, ङ,); खोल.

guy (n) कोणूय मनीस (किरकोळ जाल्ले भाशेन).

guzzle (v) वसवशाभाशेन भकप; गटगट पियेवप.

gymnast (n) कसरत करपी मनीस; पैलवान; व्यायामपटू; • **gymnasium (n)** व्यायामसाळ; कसरत करचेली सुवात; आखाडो.

gynaecology (n) बायलांच्या पिडांची चिकित्सा; स्त्रीरोगविज्ञान.

gypsy (n) (घो) जिप्सी; भोंवन पोट भरपी जमातीचो वांगडी.

gyrate (v) आपले भोंवतणी भोंवर मारप; गिरगिरप; भोंवाडे घालप; घुंवप.

gyve (n) बेडयो; सांखळ; खोडो.



H h

H h रोमी अक्षरमाळेचें आठवें अक्षर.

habeas corpus (n) बंद्याक जुविआमुखार हाडूक फर्मावणी (कायद्याक भरून ताका भितर दवल्ला काय कितें तें तपासूंक); बंदी प्रत्यक्षीकरण.

habit (n) सवय; वज; खोड; व्यसन; नेम; चाल; □ वसां; • **habitual (adj)** सवय, व्यसन आशिल्ला; □ नेमान करपी (भोंवप बी); • **habitual criminal (n)** खांपो, संवकल्लो गुन्यावगार.

habitable (adj) रावक योग्य (घर); रावीत्याक फावोशे; • **habitant (n)** रावणी व्यक्ती; निवासी; • **habitat (n)** एकाद्या प्राण्याचे नित्याक रावपाचे ठिकाण; शेवणी वा हेर जनावरांचे वसतेचें सैमीक ठिकाण; वसती; सैमिक रावतिका.

hack (v) कुडके करप; कातप; चांचावप; □ कातरून वाट तयार करप; • **(n)** खाप; घाय; • **hacking (adj)** सुकी (खांक); • **hack-saw (n)** धातू कातपेली लहान खरवत (चौकटेंत बसयल्लें पातें).

hackneyed (adj) वापरून वापरून घोळिल्लें वा अर्थ वगडावन वशिल्लें (वाक्य).

haemoglobin (n) (घो) हीमोग्लोबिन; रक्तवर्णिका.

haemorrhage (n) रक्तस्राव; गात वचप.

hatt (n) आवतार्ची, आयुदार्ची मूठ.

haggard (adj) हुमक्यान, दुखीक लागून भागिल्लो; जाम जाल्लो; जाका सामकें पुरे जालां असो.

haggle (v) बदप; वांटपण करप; कवलातीच्या नेमांबंदान भासाभास करप.

hail (v) लक्ष ओडूक उलो मारप; □ येवकार दिवप; अभिनंदन करप; • **(n)** उलो; □ पावसाचे करे; □ (बाणांचो बी) पावस; • **hail from (v)** मूळचो अमक्या एका ठिकाणाचो, गांवचो आसप (तो पंजाबचो, हो मद्रासचो).

hair (n) केंस; लव; • **hairy (adj)** केंसाळ; • **haircut (n)** (केंस) कापणी; • **hair-dresser (n)** केंस मारपी (म्हज्यार रुपाक सोबसारके केंस मारपी); • **hair-raiser (adj)** भयांकृत; आंगार कांटे फुल्लोवपी; • **hair-style (n)** केंसांची मांडणी, रचणूक.

halberd (n) कुराडेभाशेन एक आवत; परशू (शस्त्र).

hale (adj) पटमूट; कुटकुटीत; टणटणीत; भलायकेन बरो.

half (n) अर्द; अर्द वांटो; • **(adj)** अर्धो; अर्दकुटो; • **(adv)** अर्दान (भरिल्लो); अर्द (भरिल्लो); • **halve (v)** दोन सारके वांटे करप; दोन अर्दां करप; • **half-baked (adj)** सारको भाजूंक शिजूंक ना असो; □ अरवळ; बुद्दीन अर्दकुटो; • **half-hearted (adj)** मनापासून करूंक ना असो (वावर); पुराय मन लावंक ना असो; • **half-mast (adj)** अर्द्यार देंवयल्लो (बावटो); • **half-time (adj)** अर्दवेळ (काम); • **half-way (adv)** अर्द वाटेर; • **half-yearly (adj)** वर्सांक दोन फावटीचो; स-म्हयनाळो; • **half brother (n)** सवत भाव; सावत्र भाव; • **half sister (n)** सवत भयण; सावत्र भयण.

hall (n) (घो) हॉल; साल; घरांतली उठपा-बसपाची आसकळ विसकळ कूड; □ सभाघर.

hallow (v) पवित्र करप; पवित्र मानून पुजा करप.

hallucinate (v) भ्रमांत घालप, पडप; (नाशिल्लें) आसाशें दिसप; • **hallucination (n)** (प्रत्यक्षांत ना तें) दोळ्यांक आशिल्लेभाशेन दिसप; नसतो भ्रम.

halo (n) वलय; प्रभावळ.

halt (v) थांबप; रावप; पेणें करप; • **(n)** थांबो; पेणें; विसवाचीं सुवात; रावतिका.

halter (n) काडणी; दावें.

ham (n) दुकराच्या जांगडाचें मांस (खावंक तयार केल्लें).

hamlet (n) ल्हान खेडें.

hammer (n) कुऱ्टी; तुतयो; हातोडो; घण; • **(v)** धाडावप.

hamper (v) आडखळ हाडप; आडमेळें हाडप; मेकळेपण काडप; • **(n)** धांपण्याचो कंडो; पेटारो.

hand (n) हात; घडयाळीचो कांटो; कामाक दवरलेलो मनीस; पालव; आधार; हातभार; □ एक माप; □ हातबरप; अक्षर; • **(v)** हातान दिवप; पावोवप; • **handful (n)** मूठभर; थोडी संख्या; • **handbag (n)** हातांत घेवन भोंवता तसली पर्स वा बॅग; • **handbill (n)** पत्रक; • **handbook (n)** म्हायतेची पुस्तिका; • **handcuff (v)** बेडयो घालप (गुन्यावगाराक); • **handcuffs (n)** बेडयो; • **handmade (adj)** (यंत्राचो वापर करिनासतना) हातांनी केल्ली (वस्त); • **hand-rail (n)** गरादीचो बी हातरूळ; • **handwriting (n)** हस्ताक्षर; हातबरप; • **hands off! (int)** हात लावं नाकात !; • **hands up! (int)** हात वयर करात !

handicap (n) अवगडाय; न्यून; उणी आशिल्ली गजाल (पेटी वाजयतल्याक बोट नासप); कुडींत वा बुदयींत आशिल्लें उणेपण; • **handicapped (adj)** अपंगूळ; पांगळो.

handicraft (n) हातकारागिरीचें काम; हस्तकौशल्याच्यो वस्तू.

handiwork (n) हातीकाम; करणी.

handkerchief (n) लेंस; रुमाल.

handle (n) (घो) हॅण्डल; वस्तू धरूंक आशिल्ली मूठ; कान; (कोयतेचो) थोरू; (सान्नीचो) मुंडो; ठोमूस; • **(v)** हातांत धरप; हाताचो उपेग करप; □ हाताळप (भुरग्यांक बी); वेव्हार करप; □ वागोवप.

handloom (n) हातमाग.

handsome (adj) देखणो; रुपेस्त; सोबीत; सुंदर; □ खूब व्हड; हात सोडून दिल्ली (देणगी).

handy (adj) (वापरूंक) तयार, सोपो; हाताकडेन आशिल्लो; □ अनुकूळ; उपेगाचो.

hang (v) हुमकळप; हुमकळावप; लांबकळप; लांबकळावप; लांबप; लांबावप; □ गोळार मारप, दिवप, मरप; □ (तकलो) बागोवप; • **wooden hanger for clothes (n)** खुट्याळे; • **hanger for resting oar (n)** धार्णे; • **hangings (n)** हुमकळायल्ले पडदे; वणटीवयल्यो वस्तू.

hangar (n) विमानां दवरपाची मुवात; विमान-थळ.

hank (n) सुतायें वा सरयेचे गुठळ; लडी.

hanker (v) (कितेय मेळोवपाक) लालचावप; आशावप; खर इत्सा धरप; मेळोवपाखातीर फाट धरप.

haphazard (adj) अस्ताव्यस्त; अद्दातद्दा; □ जाल्यार जालो असो; योगायोगाचेर निंबून आशिल्लो.

happen (v) जावप; घडप; आसप; योगायोगान जावप; घडप बी; • **as happened** जशें घडलें तशें; इतभूत; • **happening (n)** घडणी; घडामोड; प्रसंग.

happy (adj) समाधानी; खोशी, धादेशी, आनंदीत; • **happiness (n)** आनंद; सुख-समाधान; • **happy-go-lucky (adj)** आलमीखुशाल.

harangue (n) पोटतिडकीचें उलोवप; लांबलचक भाशण; लैक्चर; व्याख्यान.

harass (v) त्रास दिवप; सतावप; छळ करप; कचकचावप; जळोवप; • **harassment (n)** त्रास; सतावणी, छळ; जळोवणी.

harbour (n) बंदर; गोदी; धक्को; आलाशिरो; आसरो; • **(v)** तकलेत (बायट) घोळोवप; आलाशिरो दिवप.

hard (adj) घट; टणक, मोडूक वा फोडूक कठीण असो; □ अवघड (शिकपाक बी); निश्ठूर; मनान निबर; कठोर; □ हाल-उपाद्यांचो; □ (उदक) दाट; • **(adv)** मोट्या कश्टान; सामको लक्ष दिवन; • **harden (v)** घट करप, जावप; निबर जावप; □ निगरघट्ट जावप; • **hardship (n)** त्रास; दगदग; हाल; कश्ट; • **hard-and-fast (adj)** (नेम) बदलूक जायनात अशें; • **hard-earned (adj)** कश्टान जोडिल्लो; अडचणी वालांडून मेळयल्लो; • **hard-headed (adj)** वेव्हारी; शिट्टक; व्हावन वचना असो; • **hardware (n)** लोखणी सामान, आवतां बी; □ सामुग्री; • **hard water (n)** निर्फेण उदक.

hardy (adj) कुडीन घट; वत-पावस लागना असो; जाका पुरो बी जायना असो.

hare (n) सोंशाभाशेन घाण्याची एक जात.

harem (n) मुस्लीम घराण्यातले बायलानी ऊठ-बस करपाचे साल; जनानखान्यातल्यो बायलो.

harm (n) इबाड; इजा; तुसकान; बादिकार; • **(v)** तुसकान करप; इजा करप; • **harmful (adj)** तुसकान करपी; इजा करपी; • **harmless (adj)** तुसकान करिना असो.

harmonica (n) चेरमेल; बाजो.

harmonics (n) स्वरविज्ञान.

harmonium (n) बाजोयाची पेटी; बाजो.

harmony (n) सुमेळ; सूरमेळ; सूरसंगम; □ काळजाचो एकवट

harness (n) घोड्याची साज-सामुग्री; □ वाहनाची सामुग्री; • **(v)** घोडो गाडयेक बांदप; □ उपेग करप; उपेगाक लावप; शक्त कामाक लावप; • **in harness** = काम करतना.

harp (n) एक वाड तंतूवाद्य; • **harp**

on (v) एकाच विशयाचेर बडबडप.

harrow (n) कशिल्ली भूंय तळार हाडपाचें दांतऱ्यांचें आवत; • (v) दांतरो भोंवडावप; □ दुख्ख, कश्ट दिवप; दुख्ख दिवन कळवळावप; कळवळप; • **harrowing** (adj) कळवळायणी; तळमळायणी (परिस्थिती).

harsh (adj) (ध्वास्त) सामकी कडक; निश्ठूर; □ (आवाज) कर्कश, घोगरो.

harvest (n) पिकावळ; पीक; लुवणी; (नाल्लांचो) पाडो; • (v) लुवप; पाडो करप; • **harvester** (n) लुवपी; • **coconut harvester** (n) पाडेली.

hassle (n) किटकीट; अवगडाय; कातलावणी; □ झगडें; वाद; • (v) कातलावप; सतावप; तिडावप; वाद घालप; झगडप.

haste (n) ताकतीक; घालाघाली; धांवाधांव; • **hasten** (v) ताकतिकेन वचप, येवप बी; (कितेंय) बेगीबेगीन, रोखड्यारोखडें करप; • **hasty** (adj) ताकतिकेन केल्लें (काम) वा घेतिल्ली (धारावणी बी); पुराय विचार करिनासतना घेतिल्लो (उपाय); □ रोखडोच तापपी.

hat (n) (घो) हॅट; चेपें; • **hat-trick** (n) (खेळांत) एका फाटल्यान एक मारिल्ले तीन गोल, धरिल्ल्यो तीन कॅची बी.

hatch (n) वणटीक वा दाराक आशिल्लें ल्हान जनेल (भितरल्यान कितेंय दिवंक बी); • (v) तांतयांतल्यान पिलां काडप; तांतीं फुटून पिलांचें भायर सरप; तांतयांचीं पिलां जावप; रवाणा बसप; □ (कारस्थान) रचप.

hatchet (n) ल्हान कुराड; फरसूल.

hate (n) तिरस्कार; अखटाय; कुण्णटाय; दुस्वास; • (v) दुस्वास करप; तिरस्कार करप; • **hatred** (n) नसाय; दुस्वास; तिरस्काराची भावना.

haughty (adj) चड गर्विश्ट; बडवचाराचो; घमेंडी; आपणाक कोणतरी मोटो समजुपी; • **haughtiness** (n) खरमस्ती; मद; घमेंड.

haul (v) बळ लावन ओडप; नेटान ओडप; • (n) एकेच फावटीची रास (नुस्त्याची); एकेच फावटीची लूट; • **hauler** (n) (गाडो बी) ओडपी; खणींतल्यान मीन गाड्यांत भरून गाडो ओडून व्हरपी.

haunch (n) भेंड आनी कुलो; □ मेरवाच्या जांगडाचें मांस.

haunt (v) भुताटकी जावप; भुताचो राबितो आसप; मनांत (उगडास) येत रावप; परपरत वचप; • (n) सदांच वचपाची सुवात; अड्डो; □ जनावरांची उदकाची सुवात.

have (v) आसप; दवरप; मेळोवप; प्राप्त करप; घेवप; काडप; करप; करून घेवप; • **haves and have-nots** (n) संपत्ती आशिल्ले आनी नाशिल्ले.

haven (n) बंदर; गोदी; धको; बोटींची बी आलाशिऱ्याची सुवात.

haversack (n) खांदार वा फाटीर हुमकळावपाची पोती (प्रवाशाची, शिपायाची बी).

havoc (n) आकांत; सांवार; अनर्थ; प्रलय; नाश.

hawk (n) दुसऱ्या जिवांचेर जगपी एक पक्षी; शिकार करतल्याक मजत करपी एक पक्षी; गिडगो; □ तीख नदरेचो; घातकी; • (v) भोंवन म्हाल विकप; □ घुरी घालप; □ खांकप; • **hawker** (n) फेरीवालो, भोंवन म्हाल विकपी.

hay (n) (गोरवांचें) सुकें तण; • **hay-stack** (n) तणाचें गुडवें.

hazard (n) संकश्टांत, लुसकानांत घालपी वस्त वा गजाल; जोखमेची वस्त वा करणी;

• (v) संकश्टांत घालप; जोखीम घेवप; धाडस करप; • **hazardous (adj)** संकश्टाक आमंत्रण दिवपी; त्रास दिवपी; जोखमेचो (प्रवास वी).

haze (n) विरळ धुकें; स्पश्ट दिसना अशें वातावरण; • **(adj)** अंधूक; धुंवरेन व्यापिल्ली (भोंवतड).

head (n) शीर; तकली; मुंड; माथें; तालू; □ मन; □ बुद्दद; □ कित्याचोय फुडलो वा वयलो भाग; □ तेंगशी; तेमूक; माथो; □ शिर्शक; □ न्हंयचें, व्हाळयेचें बी मूळ; □ मुखेली; फुडारी; अध्यक्ष; मुख्य (अध्यापक); (दर एक) मनीस; • (v) फुडे वा मुखार आसप; धारावीक वाटेन वचप; शिर्शक दिवप; □ फुटबॉलाचेर तकली मारप; • **heading (n)** माथाळो; • **headache (n)** कपल उसळप; चिंता; • **headgear (n)** तोपी, चेरें, हॅलमेट बी; • **headland (n)** भुंयशीर (दर्यात गेल्ली); • **headline (n)** पेपराची माथाळ्याची ओळ; • **headquarters (n)** मुखेल कचेरी; • **headstrong (adj)** हटी; आपसुलाद; तकलेंतलें कशेंच सोडिना अशो; • **headway (n)** प्रगती; उदगत; फुडें सरप; • **headwound (n)** कॉक; • **heady (adj)** उळउळो; □ तकलेक लावन घेवपी; तकलेक चडपी.

heal (v) भलायकी (इबाडिल्ली) निवळप; निवळावप; घाय भरून येवप; पेखप; गूण पडप; • **healer (n)** भलायकी निवळावपी.

health (n) भलायकी (बरी वा वायट); आरोग्य; • **healthy (adj)** भलायकेन बरो; निरोगयाळो; □ आरोग्यवर्धक; निर्मळ (वृत्ती).

heap (n) रास; सांठो; ढीग; पुंजो; • **(v)** राशीर मारप; सांठोवप.

hear (v) आयकप; कानार पडप; कळप; □ न्यायालयांत खटलो चलोवंक घेवप; • **hearing (n)** आयकुपाची तांक; □ खटल्याची सुनावणी; • **hearsay (n)** आयकीव गजाल; फाकाय; वदंता; हूल.

hearse (n) प्रेत व्हरपाची गाडी; शवयान.

heart (n) हृदय; काळीज; □ केंद्र; मदली सुवात; म्हत्वाची सुवात; म्हत्वाची गजाल; □ मन; अंतर; अंतस्कर्ण; □ धाडस; उमेद; • **heart disease (n)** काळजा-पिडा; • **kind hearted (adj)** दयाळ काळजाचो; • **hard hearted (adj)** फातरा काळजाचो; • **broken hearted (adj)** निर्शेल्ल्या काळजाचो; • **hearten (v)** उमेद येवप; धीर मेळप; • **heartless (adj)** निश्ठूर; क्रूर; • **hearty (adj)** मनापासूनचें (अभिनंदन); • **heart attack (n)** (घो) हार्ट अॅटॅक; काळीज बंद पडप (जायतेदां मरणाक कारण जावपी); • **heart failure (n)** काळीज बंद पडप (मरण हाडपी); • **heartfelt (adj)** प्रामाणिक; मनापासूनचें (दुख्ख); • **heart-warming (adj)** मनाक समाधान दिवपी; • **by heart (adj)** तोंडपाठ जाल्लो; घट लक्षांत उरिल्लो; • **lose heart (v)** निर्शेवप; • **take heart (v)** उमेद येवप; धिटाय येवप; • **heart's content (adv)** असुदाय; खुशाल काळजान; मनसोक्त.

hearth (n) घरांतली घाटी.

heat (n) हुनसाण; गरमी; ताप; गुजगूज; हुलप; ऊब; □ उचांबळाय; राग; ओग; • (v) तापोवप; • **heated (adj)** हुनहुनीत; किंवार येवन केल्ली (चर्चा); • **heater (n)** उदक हून करपी उपकरण; हवा गरम करपी उपकरण; तापन; • **heat-stroke (n)** तापझीट; तिरमिरी; • **heat wave**

(n) तापेचें ल्हार.

heave (v) सगलें बळ लावप; उखलप; धुकलप; शेवटप; □ वयर-सकयल जावप; • (n) झटको; • **heave a sigh** (v) सुसकारो सोडप.

heaven (n) सर्ग; (कांय धर्म सांगतात ते प्रमाण) देवलोक; □ मळब; सर्गसूख दिवपी सुवात.

heavy (adj) जड; वजनी; भारादीक; उबारूंक कठीण असो; खूब (काम बी); • **heavy industry** (n) भारादीक उद्देग (यंत्रां, धातू घडोवपाचो).

heckle (v) भाशण करतल्याआड कुयो घालप.

hectare (n) (घो) हॅक्टर; धा हजार चौखणे मीटर.

hectic (adj) उसरपत नाशिल्लो; धांवाधांवीचो.

hedge (n) निवलांची वंय; आडो; • (v) वंय घालप; रेवाडो घालप; □ वादांत, चर्चेंत, अलिप्त रावप; सुगूर रावप; • **hedging** (n) लुसकान जावचें न्हय म्हणून केल्ली पूर्वतयारी; बंदोबस्त; सट्ट्यांत लुसकान जाल्यार तें भरून काडपाची दुसरी मांडणी.

heed (v) आयकप; मनार घेवप; लक्ष दिवप; • (n) चत्राय; जागृताय; लक्ष.

heel (n) खोंट; पांयाचो खूर; • (v) खोंट मारप; फांपार मारप.

hefty (adj) घटमूट आनी जायेसान व्हड (मनीस); नेटाची (लाथ).

hegemony (n) फुडारपण; वर्चस्व; वरतेपण.

heifer (n) पाडी (जिचें वीत जावंक ना अशी).

height (n) ऊंचाय; उबारी; तेमूक; तेंगशी; कळस; तोंक; माथो.

heinous (adj) दारूण; भयंकर; सामको वायट.

heir (n) वारस; येरदेर; उत्तराधिकारी; दायजी; • **heiress** (n) येरदेरीण; • **heirloom** (n) घराब्यांतली पूर्वपुरातन मोलादीक वस्त.

helical (adj) वेड्यांचो; मळसूदीभाशेन; घुंवाड्यांची (इस्काद).

helicopter (n) (घो) हॅलीकॉप्टर.

helium (n) जळना तसलो बोमाड्यांनी भरतात तो वायू.

helix (n) मळसूद; वेडो.

hell (n) नरक; यमकोंड.

helm (n) सुकाणें; येरें; तारवाची दिशा बदलपी कळ; □ सरकार; नियंत्रण.

helmet (n) (घो) हॅलमॅट; शिरस्त्राण.

help (n) पालव; मजत; आधार; हातभार; • (v) पालव दिवप; मजत करप; • **helper** (n) आधारी; मजत करपी मनीस; **helpless** (adj) दुबळो; निराधार.

hem (n) गोट; मेटण; • (v) गोट लावप; मेटप.

hemisphere (n) पृथ्वीचो अर्दगोल.

hemp (n) सण; ताग; अणशी.

hen (n) कुकड; कोंबी; □ शेवण्याची मादी; • **henpecked** (adj) बायलेच्या सांगण्याचो; बायलबदो.

henchman (n) भरवंशाचो वांगडी; चेलो; शेलको; पाळवो.

herald (n) (फेस्तापयलींची) फाम; (आदल्या काळा) राजाचें सांगणें लोकामेरेन पावोवपी; दवणेंकार; • (v) मुखार घडटले घडणेची सुनशा दिवप; (फेस्तापयलीं) फाम घालप.

herb (n) वखदी वनस्पत; रूच वा सुवादाक उपकरपी वनस्पत.

Herculean (adj) खूब कठीण वा

धोक्याचें (काम).

herd (n) हिंड (गोरवांचो वा हेर खंयचेय एकेच जातीच्या जनावरांचो); • **(v)** (गोरवां) एकठांय करप; • **herdsman (n)** गोरवां-राखणो.

here (adv) हांगा; हे सुवातेर; ह्या वेळार; ह्या खिणाक; • **hereabout (adv)** हे सुवातेभोंवतणी; लागींच; • **hereafter (adv)** हाचेफुडें; हाचेउपरांत; • **hereby (adv)** हे वरवीं; हाचेवयल्यान.

heredity (n) सभावगुणाचे, चरित्राचे दायज; वंशपरंपरा; जाणट्याची देण; बड.

heritage (n) (मोलादीक वास्तू, साहित्याचे बी) दायज; वाडवडिलांनी, जावन गेल्ल्या मनशांनी दवरलेलो ठेवो.

hermit (n) संन्याशी; आश्रमवाशी; • **hermitage (n)** संन्याशाचो आश्रम; मठी.

hernia (n) (घो) हर्निया; आंत-वाड.

hero (n) वीर; कर्तुत्वी मनीस; जैतवंत मनीस; ◻ कादंबरी, नाटक वा सिनेमातलो बी नायक, मुखेल नट; • **heroic (adj)** पराक्रमी; जैतवंत; धाडसाचो; • **heroine (n)** नायिका; मुखेल नटी; वीर; • **heroism (n)** पराक्रम; वीरताय.

heroin (n) मॉर्फिनापासून काडिल्लें एक वखद.

hesitate (v) अनमनप; फाटीफुडें सरप; कितेंय करूंक कचरप.

hetero (adj) विषम; असम; वेगळो; परो (दुसरो); • **heterogeneous (adj)** जातीन वेगळो; प्रकृतीन वेगळो; जिनसां-जिनसांचो; पंचभरस कसो; खिचडेभाशेन.

hew (v) कुराडीन वा तरसादीन कातरप; कुडके करप; वाट निवळ करप; कातरून आकार दिवप.

hexagon (n) स कडांची, स कोनांची आकृताय वा वस्त.

heyday (n) बरे दीस; म्हत्वाचो काळ; तरतराचो काळ.

hibernate (v) (बेब्यांभाशेन कांय काळ) ओगी पडप; न्हिदो काडप.

hiccough, hiccup (n) खिवणी; खेयणी; बाळकी.

hide (v) लिपप; लिपोवप; गड्डासप; • **(n)** रानसावदांची तेळणी करूंक केल्ली खोंप; ◻ जनावरांचे चामडें; • **hideout (n)** लिपून रावचेली सुवात; आडोसाचो जागो.

hideous (adj) विद्रूप; भिराकूळ; हळशिकावणो.

hierarchy (n) धर्माधिकारी, पुरयत वर्ग; क्रमपरंपरा; पांवड्याप्रमाण क्रम; पांवड्यान मांडावळ; श्रेणी.

high (adj) ऊंच (दोंगर); ऊंचायची (इमारत); चड (गाडयेचो वेग; गती); चड बरे (मत); व्हड (आस्त); वरिष्ठ, ऊंचलो (अधिकारी); उदात्त (विचार); नेटाचो (वाव); वयले पट्टेचो (आवाज); • **highly (adv)** चड; खूब (खोशी जाला); बरे (उलयता); • **higher education (n)** विद्यापिठांतलें शिक्षण; • **high-handed (adj)** कोणाक विचारिनासतना घेतिल्लो (निर्णय); एकतर्फी; • **highlands (n)** पठारी प्रदेस; दोंगरमाथ्यावयलो प्रदेस; • **high level (decision)** ऊंचल्या लोकांनी घेतिल्लो (निर्णय); वयल्या पांवड्यावयली (थारावणी); • **highlight (n)** मुखेल गजाल; • **high-pitched (voice) (adj)** किणो (आवाज); • **high-spirited (adj)** उमेदी; • **high tide (n)** भरती; • **highway (n)** मुखेल रस्तो; • **highwayman (n)**

रस्त्यार लोकांक आडावन लुटपी मनीस (आदल्या काळार घोड्यार बसून अशे लोक येताले आनी प्रवाशांक लुट्टाले); वाटमारो.

hijack (v) प्रवासांतलें विमान जबरदस्तेन ताब्यांत घेवप; वाहनाचें अपहरण करप.

hike (v) पांयांनी चलप; □ मोल वाडोवप; • (n) पांयांनी पयस वचपाची भोंवडी.

hilarious (adj) उमेदी; खुशाल; धादोशी; सदा आनंदी.

hill (n) गुडो; गुडी; घाट; दोंगुल्ली; चडाव; सडो; तेंबी; • **hillock** (n) दोंगुल्ली; • **hilly** (adj) वयर-सकयल; दोंगुल्ल्यांचो वाटार.

hilt (n) तरसादीची, सुरयेची बी मूठ; **upto the hilt** पुरायेन, पूर्णतायेन.

hilum (n) बोंबली; बियेचो दोळो (जंयसावन आंकरी फुट्टा).

hind (n) मेरू; भेकरें (मादी); □ फाटलो भाग.

hinder (v) आडावप; आडखळ हाडप; थांबप; थांबोवप; मोडटो घालप; • **hindrance** (n) आडावण; आडमेळें; विघ्न.

hindsight (n) (जावन गेले उपरांत) कळावान आयिल्लें शाणपण; खंय चुकलें ताचो सोद.

hinge (n) जोडो; बिजागर; • (v) जोडो लावप.

hint (n) इशारत; पूर्वसुचोवणी; चत्राय; • (v) इशारत दिवप; आदीं पयलीं शिटकावप.

hinterland (n) दयदिगेसावन वा बंदरासावन भितर आशिल्लो वाटार.

hip (n) पेंगट; भेंड; कमराचो फाटलो भाग.

hippie, hippy (n) (घो) हिप्पी; समाजाचे नितीनेम माननाशिल्लो विक्षिप्त कपडे घालपी आनी विक्षिप्त वागपी मनीस.

hire (n) भाडें; वस्त वापरपाचें मोल; • (v) भाड्याक घेवप वा दिवप; • **hire purchase** (v) हप्त्यांनी दुडू फारीक करपाचे कबलातेन वस्त विकती घेवप.

hiss (v) (जिवाण्यान) फोंस्स करप; □ हिस्स करून नापसंती दाखोवप; • (n) नापसंतीचो हिस्स आवाज.

histology (n) सजीव पेशींचे घडणेचें शास्त्र; सूक्ष्मपिंड रचनाशास्त्र.

history (n) इतिहास; पूर्ववृत्त; आदल्या म्हत्वाच्या घडणुकांची नोंद, वर्णन, अभ्यास बी; • (adj) इतिहास (ग्रंथ); • **historian** (n) इतिहासकार; इतिहासाचो अभ्यासकार; इतिहास बरोवपी; • **historic** (adj) म्हत्वाचो; इतिहासीक (घडणूक); • **historical** (adj) इतिहासासंबंदीत, इतिहासांतल्यो व्यक्ती वा घडणुकांसंबंदीत (इतिहासीक संशोधन; इतिहासीक कादंबरी); जें खऱ्यांनीच घडलां अशें (काणयांतलें, पुराणांतलें न्हय अशें); • **historiography** (n) इतिहास-लेखन; • **make history** (v) कितेंय चड म्हत्वाचें करप; सगल्यांत पयलीं करप.

histrionics (n) अभिनय-कला; नाट्य-कला; □ दुसऱ्याचेर छाप मारपाची कला; नाटकी आव.

hit (v) (घट वस्तूक) आदळप; आपटप; □ (घट वस्तू) नेटान बसप; मारप; मूठ मारप; बडोवप; पेट दिवप; धपके घालप; प्रहार करप; (आर्माची गुळी) लागप; (सोदले उपरांत) सांपडप; हालउपाद्ऱ्यांनी सांपडप; • (n) पेट; मार; धपको; आदळआपट; □ जैतवंत, लोकप्रिय गजाल; • **hit and run** (v) धपको दिवन पळप; अपघात करून ना जावप; • **hit below the belt** (v) मर्मस्थानार मारप, प्रहार करप.

hitch (n) अडचण; आडखळ; गांठ; घुसपण; नकलामी; □ लंगडी चाल; □ हिसडो; • **(v)** (गोरवांक बी) बांदप; □ चलत वचप; • **hitch-hike (v)** दुसऱ्याच्या मोटारींनी फुकट्याक भोंवप.

hither (adv) हे सुवातेर; हांगा; लागीं; • **hither & thither (adv)** जळामळा; हांगाथंय; • **hitherto (adv)** आतांमेरेन.

hive (n) म्होंवा-मुसांचें मालें; पोळें; मूस पोसतात ती पेट; □ लोकाची खेट; गर्देची सुवात; • **(v)** पुंजावप; एकठावप; सांगाताक रावप.

hoard (n) लिपोवन दवरलेलो सांठो; • **(v)** लिपोवन सांठो करप.

hoarding (n) इमारत बांदतना, सरी करतना वा मोडटना भोंवतणी घाल्लें तत्पुरतें आडावण; □ मार्गांकुशीक जायराती बी लावक उबारलेलें तिकटें; व्हड जायराती लावपाखातीर राखून दवरलेली वणटीची सुवात; • (चोरयां विकूक केल्लो) मालाचो सांठो.

hoarse (adj) सरांटलेलो, पडिल्लो, बशिल्लो (ताळो); घोगरो; कर्कश.

hoary (adj) चड जाणटो; पिरायके लागून केंसांनी धवसो, गोबरो.

hoax (n) हूल; लोकाक फटोवंक घाल्ली फाकाय; • **(v)** (दवरलेलो नासतना अमकेकडेन बॉम दवरला म्हणून) हूल उठोवप.

hob (n) जिनस तापोवंक वा हून दवरूंक वापरपाची चुलीकुशींतली आटी वा कुकरांतली जाळी, ताटली.

hobble (v) कुटप; लंगडप.

hobby (n) छंद; नाद; फुरसती वेळार करपाची आवडीची गजाल.

hobnail (n) बुटाक बी पोंदा मारतात तो बुतांवाचो खिळो; घोड्याक मारतात तो खिळो.

hobnob (v) दुसऱ्या सांगाता हटमटवळां करप; मौजमजा करप; पियेवंक रोदाक बसप.

hockey (n) (घो) हॉकी; एक खेळ.

hocus-pocus (n) चलाखी; गोड-गोड आस्वासनां; □ गारुड्याचो खेळ; • **(v)** फकत आस्वासनां दिवप; गोड-गोड उलोवन फटोवप; लोकाक उतरांनी भुलोवन काम सादोवचो प्रयत्न करप.

hoe (n) दांतरें; माती बोंचावपाचें आवत; • **(v)** माती उसतून भुसभुशीत करप.

hog (n) दुकर; • **(adj)** आशेभगत; भकारो.

hog-plum (n) आंबाडो (फळ).

hoi polloi (n) चालंत लोक; भौस; जनसामान्य.

hoist (v) उबारप; वयर काडप (घुडी, बावटो); • **(n)** म्हाल उबारपाचो गरो.

hold (v) हातांत, चिमट्यांत बी धरप; आडावन दवरप; आसपावन घेवप; ताब्यांत दवरप; (सभा, बसका बी) घेवप; (मनांत) दिसप; (लक्ष) लावप; (परब) मनोवप; • **(n)** ताबो, शेक; □ बचको; बोटींतली सामान, म्हाल दवरपाची डॅकापोंदची सुवात; • **holdall (n)** प्रवासाचें सामान (कपडे बी) घालपाचें बॅग (झीप आशिल्लें वा बांदपाचें).

holding (n) खंडाचें ठिकाण; • **holdings (n)** आस्पत (भाटांबेसां, शॅर्स बी).

hole (n) बुराक, बीळ; बोंथो; फोंड; □ कारस्थानां रचूंक बसपाची सुवात; • **small hole (n)** बिणकूल.

holiday (n) सुटी; सोड; रजा; मेकळीक; फुरसत; अवसर.

holler (v) तापप; (रागान) फडफडप;

बोब मारप; आड्डप.

hollow (adj) पोकळ; पोको; रितो; रिकामो; □ तत्वहीन; □ खोटो; बनावटी; □ खोलसाणीचो; • **(n)** विवर; भुंयार.

holocaust (n) (चड करून उजो लागून) सर्वनाश; गोबर; जिवीत-हानी.

holster (n) पिस्तुलाचें चामड्याचें पाकीट (कमराक लावपाचें).

holy (adj) देवधर्मीक; पवित्र; मंगल; उजू; पूज्य; • **holiness (n)** पवित्रताय; संतपण; • **His Holiness (adj)** परमपावन.

homage (n) अर्गां; नमन; श्रद्धांजली.

home (n) घर; रावतिका; □ ठिकाण; गांव; शार; □ बिराड; थाणें; □ स्वदेश; मांयभूंय; □ अनाथालय; आश्रम; • **(adj)** घरावो; देशी; □ आपलो; • **homeguard (n)** (घो) होमगार्ड; नगरसैनिक; • **homely (adj)** घराबो कसो; घर कशें (वातावरण); • **homeland (n)** स्वदेश; आपलो गांव; • **home-made (adj)** घरांत केल्लो; • **home rule (n)** स्वराज्य; • **homesick (adj)** घराच्या उगडासान भागिल्लो (परगांवांत); • **homework (n)** घरा करपाचो अभ्यास.

homicide (n) एका मनशान दुसऱ्या मनशाचो केल्लो खून; हत्या.

homily (n) उपदेस; धर्मोपदेस; नितीचेर प्रवचन.

homoeopathy (n) (घो) होमिओपाथी; पिडेचेर उपचार करपाची एक तरा; समचिकित्सा.

homogeneous (adj) एकजिनसी; एकेच तक्षिमेचो; एकाच वर्गणाचो.

homonym (n) आयकूंक एकासारकें पूण अर्थान वेगळें उतर (there, their).

hone (n) साण; धार काडपाची फातर.

honest (adj) सत्यान चलपी; कोणाक फटयना असो; इमानी; चलणुकेन उजू; • **honesty (n)** इमान; उजू चलणूक.

honey (n) म्होंव; □ प्रिय व्यक्ती; • **honeybee (n)** म्होंव दिवपी मूस; • **honeycomb (n)** मुसांचें मालें; पोळें; बडियाळें; • **honeymoon (n)** लग्ना उपरांत रोखडीच जोड्यान काडिल्ली भोंवडी; मधुचंद्र; □ आनंदाची घडी; • **honeysweet (adj)** म्होंवाळ.

honk (v) मोटारीचो हॉर्न वाजोवप; • **(n)** कोर्नो; □ बक्यांचो कॅंक-कॅंक आवाज.

honour (n) मानमर्याद; इज्जत; प्रतिश्ठा; भोवमान; नामना; फांक; बिरूद; पदवी; • **(v)** भोवमान करप; सत्कार करप; पदवी, बिरूद भेटोवप; (उतर) पाळप; • **honorary (adj)** मानाचें (स्थान); जंय पगार मेळना अशें (स्थान); □ भोवमानाची (पदवी); • **honourable (adj)** भोवमानेस्त; मानादीक; • **honorarium (n)** मानधन (पगार न्हय); • **honours (n)** कॉलेजां, विद्यापिठांनी दिल्ली पदवी; □ मानसन्मान; • **word of honour (n)** वचन; उतर.

hood (n) माथ्याचें तोपरें; कानतोपी; □ माथें धांपचेलें आवरण; खोळ; □ गाडयेचो हूड; मोटारीचो टप; □ विद्यापिठाची पदवी दितना वा घेतना घालपाचो शिरसाज; □ सोरपाचो फणो.

hoodlum (n) तवनास; गुंड; मवाली; हटमटवळी.

hoodwink (v) विस्वासघात करप; चकोवप.

hoof (n) खूर; गेत.

hook (n) गरी; आंकडो; केलें; केलकें; • **(v)** गरयेक फारावप; कांट्यांक फारावप; • **hooked (adj)** आकारान गरयेसारको

(तोंकार बागवल्लो); गरयेक फारावल्लो; ◻ वीद लागिल्लो; व्यसनाचें चेंट लागिल्लो.

hooligan (n) गुंड; तवनास; मवाली.

hoop (n) वाळो; सर्कशींतली लोखणी आटी.

hoot (v) शिटकावणेपासत व्हड आवाज करप; मोटारीचो हॉर्न मोट्यामोट्यान वाजोवप; ◻ घुगमान रडप; ◻ हुशयो घालप; धांवडावप.

hop (n) उडकी; लाग; • **(v)** लंगडी खेळप; उडक्यो, लागो मारप.

hope (n) आस्त; उमेद; भरवंसो; आदवसाण; अपेक्षा; आवडो; प्रतिक्षा; • **(v)** आस्त बाळगप; उमेद धरप; • **hopeful (adj)** बरी आस्त बाळगपी (काम जातलें बी म्हणून); भावार्थ बाळगपी; विश्वास दवरपी; • **hopeless (adj)** आस्त नाशिल्ली (परिस्थिती); हाताभायर गेल्ली; सामकी बाद; आशेक जागो ना अशी.

hopper (n) दळपाच्या वा पीठ करपाच्या यंत्राचे वयले फुनेल; ◻ उडक्यो मारपी तोळ वा हेर जीव.

horde (n) चोंबी; व्हड जमो; मनशांची खेट; उरपंजी; टोळी; पोंवो.

horizon (n) जंय भूय मळबाक तेकताशी दिसता ती ओळ; मळबाधार; क्षितीज; • **horizontal (adj)** सपाट; आडवो; उबे ओळीक काटकोनान छेदपी, समस्तर.

horn (n) शींग (गोरवाचें); ◻ वाहनाचो बोंगो (हॉर्न), वाजोवपाचें शींग; कोरनो; • **horny (adj)** शिंगाभाशेन घट.

hornet (n) गांजील; कुमान्न.

horoscope (n) जल्मकुंडली; जल्मपत्रिका; टिपण; जातक.

horror (n) वीट; हळशीक; ◻ कडकडो; थरथरो; अकाळपण; ◻ नावडटी, नाकाशी दिसपी व्यक्ती वा वस्त; भयंकर मस्ती बी करपी भुरगो; • **horrible (adj)** भयंकर; कांपरें हाडपी; विकट; • **horrid (adj)** हळशिकावणो; भयांकृत; भेसूरवाणो; • **horrify (v)** कलकलावप; (आपणें) कलकलप; आकांतप; थटाकप.

horse (n) घोडो; • **horsepower (n)** अश्वशक्त; यंत्रबळ मेजपाचें माप; • **horseshoe (n)** घोड्याच्या खुराक बसयतात तो नाल.

horse gram (n) कुळीद.

horticulture (n) बागायत-शास्त्र.

hose (n) रबराचो वा प्लास्टीकचो नळ (पायप); ◻ पांयमोजे; मेय; • **(v)** नळांतल्यान (पायपांतल्यान) उदकाची पुरवण करप; • **hosiery (n)** बानयेनां, मोजे बी विणिल्ले कपडे.

hospice (n) वसतेघर; धर्मसाळ; भोंवडेकारांक रावतिका.

hospitable (adj) बरी पावणार दिवपी; सरबराय करपी; • **hospitality (n)** सोयऱ्यांची बरी सरबराय; परामस; पावणार.

hospital (n) (घो) हॉस्पिटल; ओश्पिताल; आस्पत्री; रुग्णालय; • **hospitalize (v)** पिडेस्ताक हॉस्पिटलांत दवरप.

host (n) (लोकांचो बी) जमो; गर्दी; रास; भुरावळ; ◻ यजमान; पावणार दिवपी घरकार; कार्यावळीचो निमंत्रक; ◻ जाचेर बेनल्ल मातल्या अशे झाड; • **(v)** पावणार दिवप; यजमानकी करप.

hostage (n) मागता तें मेळचें म्हणून उबारून व्हेल्ली वा आडावन दवरलेली वस्त वा मनीस.

hostel (n) (घो) हॉस्टेल; वसतेघर; विद्यार्थी, नोकरी करतल्यो बायलो हांची रावतिका; ◻ प्रवासांत वाटेर रावपाची रावतिका (तरणाट्यांखातीर केल्ली मांडणी).

hostile (adj) विरोधी; प्रतिकूल; वैर बाळगुपी; दुस्मानकाय चलोवपी; • **hostility (n)** दुस्मानकाय; वैरभाव; • **hostilities (n)** झूज (लडाय), झुजाची परिस्थिती.

hot (adj) हून; तापिल्लो; □ तीख; मचमचीत; □ लागता, चुरचुरता तसो; □ गरमागरम; □ तापपी; • **burning hot (adj)** कडकडीत (उदक); • **hot-blooded (adj)** सळसळट्या रगताचो; उचांबळ; शिंवशिंवपी; • **hot-headed (adj)** रागिश्ट; कोपिश्ट; रोखडोच तापपी.

hotchpotch (n) खिचडी; खतखतें.

hotel (n) (घो) हॉटेल; पयशे फारीक करून खावपाची, जेवपाची, रावपाची सुवात.

hound (n) शिकारी सुणो; □ जो फाट सोडिना तसलो मनीस; उणाक मनीस; • **(v)** फाटीक लागप; सोदून काडप.

hour (n) वर; घंटो; तास; □ घडी; वेळ; वगत; म्हूर्त; • **hour-hand (n)** घडयाळीचो वराचो कांटो.

house (n) घर; घराब्याची रावतिका; निवास; □ खोंप; वाडो; बंगलो; सदन; भवन; प्रासाद; □ खाशेल्या कामापासत वापरपाची सुवात (अनाथ-घर; सिनेमा-घर); • **(v)** रावंक दिवप; घरांत दवरप; आलाशिरो दिवप; • **housing (n)** घरां; एकठांय रावपाचीं घरां बांदपाची कार्यावळ; वसणुको बांदपाची कार्यावळ; □ रावपाची मांडावळ; □ यंत्राचें भायलें आवरण; • **house-agent (n)** घर भाड्यान मेळोवन दिवपी वा घराची विक्री-खरेदी करपी दलाल; • **house arrest (n)** मनशाक ताच्याच घरांत बंदिस्त दवरप; • **houseboat (n)** रावपाची मांडणी आशिल्लें होडें; शिकारा; • **house breaker (n)** घरां फोडपी चोर; • **house-fly (n)** मूस; • **household (n)** घराबो; कुटुंब; बिराड; • **house keeping (n)** घराचो कारभार सांबाळपाचें काम; • **housemaid (n)** घरांत वावराक दवरलेली बायलमनीस; वावराडी; • **houseman (n)** ट्रेनिंगापासत हॉस्पिटलांत रावपी नवोच पास जाल्लो डॉक्टर; • **house rent (n)** घरभाडें; • **house-warming (n)** घरप्रवेशाचें जेवण; • **housewife (n)** घरसंवसार चलोवपी बायलमनीस (जी नोकरी करिना); • **households (n)** घरवत; मुस्तायकी.

House of the People (n) लोकसभा.

hover (v) (पक्षी) हवेंत उफेवप; हालचाल करिनासतना अंतराळांत रावप; □ घिरट्टी घालप; घुटमळप; □ अनमनप; • **hovercraft (n)** भुंयेक वा उदकाक तेंकनासतना मातशें उंचायेवयल्यान वचपी वाहन.

howitzer (n) ल्हान नाळ वा तोफ.

howl (v) सुण्याचें बी रडप; होळम घालप; □ वाऱ्याचो घूं-घूं असो आवाज येवप; • **(n)** कूय; होळम; दुखीक लागून मारिल्ली आरड; हांशाचो गाज; • **howler (n)** घळयेपण; व्हड चूक.

hub (n) चक्राचें केंद्र; मदली सुवात; □ जंय व्यापार धंद्याचो बोवाळ चलता ती सुवात; बोवाळाची सुवात.

hubbub (n) बोवाळ; कलकलाट; निशेधाचो आवाज; गडबड.

huddle (v) एकठांय जमप; जमोवप; भंयान, थंडेक लागून कुरंगुटेन बसप; • **(n)** रास; गडबड.

hue (n) रंग; वर्ण; सया.

huffy (adj) रागान मुमखो.

hug (v) गोपांत घेवप; वेंगेंत घेवप; खेंव दिवप; एकमेकाक तेंकून रावप; • **(n)**

मोगान मारिल्ली वेंग; खेंव.

huge (adj) खूब व्हड; विशाळ.

hulk (n) मोडक्या वा पोरण्या तारवाचो सगलें व्हेले उपरांत उरिल्लो सांगाडो.

hull (n) सोल्ल; कल्ल; □ तारवाचो दर्शनी भाग.

hullabaloo (n) कलकलाट; बोबाट; □ निशेधाची आरड.

hum (v) गुणगुणप; गूं-गूं करीत आसप; □ वायरांत गुल्ल आसप; • (n) गूं-गू आवाज; यंत्र चलता ताचो एके धारेन आवाज.

human (n) मनीस; • (adj) मनशाक सोबसो; माणसुकेचो (वेव्हार); • **human being** (n) मनीसप्राणी; • **human nature** (n) मनीस-सभाव; • **human race** (n) मानव-वंश; मनीस-जात; • **human rights** (n) मानव अधिकार; • **human sacrifice** (n) मनीस-बळी; • **humankind** (n) मनीसजात; मनीमकूळ; • **humanly** (adv) मनीस ह्या नात्यान; मनशाचे तांकीप्रमाण; मनशाच्यान जाता तेप्रमाण.

humane (adj) दयाळ; काकूट, चुरको करपी; करुणेन भरिल्लो.

humanism (n) मानवतावाद.

humanitarian (adj) लोकोपकारी; लोकहितकारी; मानवतावादी; माणसुकेचो.

humanity (n) मनीसजात; मानव समाज; • दयाळ वृत्ती; • **humanities** (n) पुर्विल्ले तत्वगिन्यानीक साहित्य (ग्रीक, रोमन वी).

humanize (v) मनशाळो करप; सुसंस्कृत करप.

humble (adj) आपणाक लहान मानपी; लहानविकायेचो; सभावान गरीब; नम्र; □ जाची गणटी ना असो; जाका मानिनात असो; • (v) दुसऱ्याक किरकोळावप; हिणसावप; कुसकुटावप.

humbug (n) भामटो; फर्टींग; लफंगो.

humdrum (adj) बेजारवाणें; कंटाळ्याचें (जिवीत).

humid (adj) ओलो; दमट; शेळावाचो; • **humidity** (n) शेळाव; ओलसाण; दमट.

humiliate (v) लज करप; चार चौगांत अपमानावप; मान देंवोवप; • **humiliation** (n) अपमान; मानभंग.

humility (n) विनय; नम्रताय; लहानविकाय (व्हड मनशाची).

hummock (n) दोंगुल्ली.

humour (n) विनोद; फकाणां; हासोवपाची कळाशी; चुरचुरीत उलोवप; • **humorist** (adj) विनोदी; हासोवपी (मनीस); फकाणेर; विनोदी बरोवपी (लेखक); • **humorous** (adj) विनोदी; हांसयणो.

hump (n) उंटाचें वा बैलाचें धोंग; कुमस्तळ; मनशाक आयिल्लें कुबड; □ मागांचे धोंग; • (v) खूब बाग घेवप; पोंग घेवप; • **humpback** (adj) धोंगापोंगाचो; धोंगयो; • (n) फाटीक धोंग आयलां असो मनीस.

humus (n) पत्री, पालो वी कुमून जाल्ली काळी माती.

hunch (n) कुबड; धोंग; □ मनाची भावना; □ काप, कुडको; • **hunchback** (n) कुबड आयिल्ली फाट.

hundred (n) शंबर; • **hundred percent** (adj) पुराय; सेर्त; शंबर टक्के; • **hundredth** (adj) शंबरावो (वांटो).

hunger (n) भूक; सोस; खर इत्सा; वानसा; □ उपास; • (v) खर इत्सा जावप; जायसो दिसप; • **hunger-strike** (n) भूक हरताळ;

अन्नाविणें रावप (अन्यायाच्या निवारणा पासत); • **hungry (adj)** भुकेल्लो; आशेल्लो; □ जाका उमळशीक लागल्या असो; • **feel continuously hungry (v)** पल्लो पडप.

hunk (n) (पावाचो, मांसाचो) कुडको.

hurdle (n) आडबारें; आडखळ; अडचण; बादा; विघ्न.

hurl (v) शेवटप; नेटान उडोवप; आपटप; मोखप.

hurly-burly (n) गोंदळ; चांचाळ.

hurricane (n) मोड; वादळ; वाव; तुफान; • **hurricane lamp (n)** लाटण; लापयांव (वाव वाडोवंक शकना तसलो).

hurry (n) ताकतीक; उचांबळाय; धांवाधांव; घालाघाल; • **(v)** ताकतिकेन वचप; व्हरप; धांवप.

hurt (n) इजा; दूख; लुसकान; • **(v)** दुखोवप; इजा करप; पिडा दिवप; सतावप; लुसकान करप.

hurtle (v) ताकतिकेन वचप; धांव मारप; आपटप.

husband (n) घोव; पती; दादलो; बामण; घरकार; • **(v)** सांबाळून खर्च करप; हातचें राखून मोडप; • **husbandry (n)** शेतकाम; • **animal husbandry (n)** गोरवां सांबाळपाचें शास्त्र; पशुसंवर्धन.

hush (v) शांत करप वा जावप; • **hush up (v)** लोकापासून लिपोवन दवरप.

husk (n) कांय फळांचीं वा बियांचीं सुकीं कल्लां वा सोल्लां; • **(v)** कल्लावप; सोलप; • **husky (adj)** घोगरो (आवाज).

hustings (n) वेंचणूक.

hustle (v) गर्दैत बी झुडून घुसप; बखांदी मारून फुडें सरप; दुसऱ्याक काचाबूल करप; • **(n)** ताकतीक; घालाघाली; धांवाधांव.

hut (n) खोंप; झोपडी.

hutch (n) सोंशाचो पांदरो (मुखार जाळी आशिल्लो).

hyaena, hyena (n) येवूल; सुणेंवागूट.

hybrid (adj) भरशीचो; संकरीत; संमिश्र.

hydra (n) नश्ट करूंक कठीण अशी वस्त; □ ग्रीक पुराणांतलो भोवमुखी सोरोप (जाचें एक तोंड चेंचल्यार दोन जातालीं).

hydrant (n) उदक घेवपाचो मार्गावयलो नळाचो खांबो (उजो पालोवपी गाडयो हांतल्यान उदक घेतात).

hydraulic (adj) व्हांवत्या उदकाविशींचो; उदकापासूनचो; उदकाच्या दाबाच्या झोतान चलपी.

hydro (n) उदक; • **hydrogen (n)** (घो) हायड्रोजन; उदजनवायू; (हाचें प्राणवायूकडेन संबंद आयल्यार उदकांत रुपांतर जाता); • **hydrogen bomb (n)** (घो) हायड्रोजन बॉम; एक अती बळिश्ट बॉम प्रकार; • **hydrology (n)** जलविज्ञान; • **hydrometer (n)** पातळ जिनस मेजपाचें उपकरण; • **hydropathy (n)** पिडेचेर उदकान केल्ले उपचार; • **hydrophobia (n)** उदकाभिरांत; उदक दिसनाफुडें आवरो उडप (पिसावल्ल्या सुण्यांचो रोग).

hyena (n) येवूल; सुणेंवागूट.

hygiene (n) भलायके-शास्त्र; आरोग्य-विज्ञान; • **hygienic (adj)** भलायकेसंबंदीत; भलायकेक बरो.

hymn (n) देवाचें गुणगायन; स्तोत्र; भजन; स्तवन; सूत्र.

hyper (adj) वयर; चड; अती.

• **hyperbole (n)** अतिशयेचें उलोवप (चड परिणाम जावचो म्हणून).

• **hypermarket (n)** गांवाभायर भरिल्लो तेरकवार जिनसाचो बाजार; फेरी; सांत.

• **hypertension (n)** वाडिल्लो रक्तदाब; वाडिल्लो ताण.

hyphen (n) मेळ घडोवपी – अशी कुरू; संदी-रेग; समास-चित्र.

hypnotism (n) संमोहन विद्या; अडेनी नींद हाडपाचें शास्त्र (हातूत नींद आयिल्ली मनीस नींद हाडटल्याक जाय तसो वागता).

hypocrisy (n) ढोंग; दंभ; लटको आब; मूळ सभावापरस आपूण कोण वेगळो अशें दाखोवपी व्यक्ती; • **hypocrite (adj)** ढोंगी; दांभिक; लटक्या आवाचो.

hypotension (n) दॅविल्लो रक्तदाब.

hypotenuse (n) काटकोनी त्रिकोणांतली काटकोना समोरची बाजू.

hypothecate (v) वस्त धाण दवरप.

hypothesis (n) मानिल्ली गजाल; गृहीत धरिल्ली गजाल; • **hypothetical (adj)** मानिल्ली, धरिल्ली (गजाल).

hysteria (n) (गो) हिस्टिरिया; वायचळ; आगात वारें चडिल्ल्याची आवतिकाय; मादान अवस्था; उन्माद.

I i

I i रोमी अक्षरमाळेचें णववें अक्षर.

ibidem (adv) थंयच; त्याच जाग्यार (ग्रंथांत; अध्यायांत; परिच्छेदांत).

ice (n) बर्फ; करे; • **(v)** बर्फांत दवरप; थंडगार करप; गोठेवप; गोठप; □ केकाचेर बी नक्षी काडप; • **ice-age (n)** बर्फ-यूग; हीम-यूग; धरतीचो चडसो भाग बर्फाभाशेन आशिल्लो तो खूब आदलो काळ; • **iceberg (n)** बर्फाचो दोंगर; • **icing (n)** केकाचेर नक्षी काडूंक वापरतात तो पंक; • **icy (adj)** थंड किरांव; थंडगार; थंड गुळो; जाचेर बर्फ जमला असो; □ काळजांत मोग ना असो; सुक्या काळजाचो.

icon (n) देवाचें वा संताचें पांयजेल; मुर्ती; • **iconism (n)** मुर्तीनिश्ठा; • **iconoclast (n)** भावार्थ-विरोधक; मुर्तीभंजक.

idea (n) कल्पना; येवजण; हिकमत; मांडणी; युक्त; चिंतनां; विचार; अदमास; मत.

ideal (adj) परिपूर्ण; आदर्श; देखीचो; • **(n)** आदर्श व्यक्ती, वस्त; हावेस; साध्य; मेळोवपासारकी गजाल; • **idealism (n)** ध्येयवाद; आदर्शवाद; • **idealist (n)** आदर्शवादी व्यक्ती.

idem (adj) तोच; त्याच बरोवप्याचो (ग्रंथ).

identical (adj) तस्सो; सारको; समान; जुळटा तसलो.

identify (v) व्यक्ती अमकीच म्हणून वळखप; वळखून दाखोवप, सांगप; □ दाट संबंद जोडप; आपलेपण दिसप, दाखोवप.

identity (n) वळख; □ खाशेलकाय; खेरीतपण; □ व्यक्तित्व; □ समानताय; सारकाय; • **identity card (n)** वळखपत्र.

ideological (adj) विचारांचेर वा सिद्धांताचेर आधारिल्लो; • **ideology (n)** विचारधार; सिद्धांत; मतप्रणाली.

idiocy (n) चळ; पिशें; नाद; • **idiot (n)** मूर्ख मनीस; बुद्दीन जड.

idiom (n) ओपार; म्हण; वाक्प्रयोग; थळावी बोली.

idiosyncrasy (n) विक्षिप्त सभाव; विक्षिप्तपण; आगळी वागणूक.

idle (adj) बेकार; आळशी; सुस्त; अडवीज; □ व्यर्थ; • **(v)** बेकारसाणेंत वेळ सारप; सुस्त पडून रावप; आळसाय करप.

idol (n) मुर्ती; पुजपाची वस्त; □ मोगाची वस्त; • **idolatry (n)** मुर्तीपुजा; अती

भोग.

idyllic (adj) मनभुलयणो; ओडलायणो; सोबीत देखाव्यांचो; गांवगारो (देखून सोबीत).

igneous (adj) अग्नीपासून जाल्लो; ज्वालामुखीक लागून जाल्लो.

ignite (v) पेटप; पेटोवप; उजो लावप; □ चाळोवन घालप; उचांबळावप; • **ignition (n)** पेट; ज्वलन; जाळ.

ignoble (adj) उणाक; हीण.

ignominious (adj) लजेक पडिल्लो; नांव घाणायल्लो; पाडो.

ignorance (n) अज्ञान; नेणारपण; अपुर्बुद्दद; • **ignorant (adj)** नेणार; अजाण; □ जाका एकादी गजाल खबर ना असो; □ शिक्षण नाशिल्लो.

ignore (v) दुर्लक्ष करप; उखेखप.

iguana (n) गाराभाशेन एक प्राणी.

ill (adj) पिडेस्त; भलायकेन बरो नाशिल्लो; वायटकार; □ रोगयाळो; इबाडिल्लो; दोश आशिल्लो; • (n) इबाड; तुमकान; वायटपण; • (adv) वायट तरेन; • **illness (n)** पिडा-रोग; • **ill-advised (adj)** चिंतलेबगर वा साकी जतनाय घेतलेबगर केल्ली (करणी); • **ill-bred (adj)** देख नाशिल्लो; असंस्कृत; अर्बट; • **ill-famed (adj)** नांव घाणायल्लो; दशा वगडायल्लो; विद्वाटो; • **ill-fated (adj)** दुर्भागी; दुर्दैवी; • **ill-feeling (n)** वायटपण; वैर; दुस्मानकायेची भावना; • **ill-gotten (adj)** आड्मार्गान जोडिल्लें (धन); • **ill-health (n)** अनारोग्य; पिडा; • **ill-will (n)** वायटपण; वायट जावचें अशी भावना; दुस्वास; • **ill-tempered (adj)** शिग्रकोपी; तापट; परत-परत तिडगी; • **ill-timed (adj)** अवेळावयलो; अवेळार घडिल्लो; • **ill-treatment (n)** छळ; अपमानाची वागणूक; सतावणी; पिडापीड.

illegal (adj) कायद्याआड; बेकायदा; कायदो मोडून केल्ली (करणी).

illegible (adj) वाचूंक येना वा वाचूंक जमना अशें (बरप).

illegitimate (adj) अनौरस; कायद्यान जाका मान्यताय ना असो; एकामेकालागीं लग्न जावंक ना अशा आवय-बापायची (संतत).

illicit (adj) समाजाची मान्यताय ना अशी (करणी); कायद्याआड; मनाय आशिल्ली.

illiterate (adj) निरक्षर; अक्षर-वळख नाशिल्लो; शिक्षण नाशिल्लो; • **illiteracy (n)** निरक्षरताय; वाचूंक-बरोवंक कळना अशी आवतिकाय.

illogical (adj) तर्काआड; विचारीक बुनयाद नाशिल्लो.

illuminate, illumine (v) दिवो पेटोवप; दिवे पेटोवन उजवाड करप; □ स्पश्ट करप; सोपेपणान समजतशें करप; □ दीपरदनांनी सजोवप; • **illumination (n)** दीपरदनांनी केल्ली सजावट; दिव्यांचो लकलक, चकचक.

illusion (n) भ्रम; भास; भूल.

illustrate (v) स्पश्ट करप; देख दिवन समजावप; उदाहरण दिवप; □ चित्रांनी पुस्तक सोबोवप.

illustrious (adj) नांवाजतो; नामनेचो; कीर्त जोडिल्लो; व्हडविकेक पाविल्लो.

image (n) चित्र; प्रतिमा; प्रतिरूप; पडबिंब; मुर्ती; बावलें; सावळी; कल्पना.

imagine (v) कल्पना करप; येवजप; कल्पप; मनांत धरप; • **imagination (n)** कल्पना; कल्पनाविलास; □ सर्जन; सर्जन-शक्त; • **imaginary (adj)** कल्पनेंतलो; सत्यसृष्टींतलो न्हय असो.

imbalance (n) असमानताय; संतुळा नाशिल्ली आवतिकाय; घाळपण.

imbecile (adj) मूर्ख; बुद्द नाशिल्लो; अक्कलशून्य; जो आपल्याक सांबाळूंक शकना असो; न्हेनो.

imbibe (v) (सोरो बी) पियेवप; (बरे गूण, विचार बी) आपणावप.

imbroglio (n) गोंदळाची परिस्थिती; घुसपण; किचकनड.

imitate (v) अनुकरण करप; दुसरो करता तशें आपणें करप; नक्कल करप; • **imitation (n)** अनुकरण; नक्कल; • **imitable (adj)** देख घेवपासारको; आदर्श मानपासारको; नक्कल करीसारको.

immaculate (adj) निर्मळ; पवित्र; निश्कलंक; शुद्ध.

immaterial (adj) म्हत्वाचो न्हय असो; गणटेभायरो; नगण्य; क्षुल्लक; □ निराकार; अमूर्त.

immature (adj) वेव्हारीक शाणपण येवंक ना असो; पोरांटो कसो; बोंडो.

immeasurable (adj) आकांत मोटो; भव्य; मेजूंक-मापूंक येना असो.

immediate (adj) सामको लागींचो; तेंकून आशिल्लो; सरशिल्लो; रोखडोच घडपाचो; • **immediately (adv)** आतांचे आतां; रोखड्या-रोखडो; कळाव करिनासतना; ताबडतोब; बेगोबेग; धांवींधांवीं.

immemorial (adj) उगडासापयलींच्या काळांतलो; चड पुर्विल्लो; अती प्राचीन.

immense (adj) चड मोटो; खूब व्हड; अगडबंब; आकांताळो.

immerse (v) बुडोवप; बुडप; उदकांत विसर्जन करप; □ तनरी लागप; (विचारांत) खोल बुडून वचप.

immigrant (n) आपलो देस सोडून परदेसांत रावपी मनीस.

imminent (adj) तेंकिल्लो; लागीं पाविल्लो; रोखडोच घडचो आसा असो (वायट प्रसंग बी).

immobile (adj) थीर; एकेच सुवातेर आशिल्लो, उरिल्लो, धरिल्लो; हालना-धोलना असो; अचल.

immoderate (adj) उर्मट; मर्याद सोडपी.

immodest (adj) निलाजरो; लज नाशिल्लो; भीड-मुर्वत नाशिल्लो.

immolate (v) आपणाक बळी दिवप; दुसऱ्याक बळी दिवप.

immoral (adj) अधर्मी; व्यभिचारी; वांकडे चालीचो.

immortal (adj) मरण नाशिल्लो; अमर; अज्रंवर; सासणाक उरपी; • **immortality (n)** अमरत्व; अमरता.

immovable (adj) हालोवंक जायना असो; थीर; स्थावर (भाट, बेंस, घर बी).

immune (adj) जाचेर परिणाम जायना असो; प्रतिकाराची तांक आयिल्लो; □ उतरां बी लागनाशिल्लो; घट जाल्लो; प्रतिरोधक; • **immunity (n)** मेकळीक; सुटका; राखण; रोगप्रतिकार-शक्त; • **immunize (v)** (वासीन दिवन) प्रतिकार-शक्त वाडोवप.

immutable (adj) बदलना असो; आसा तस्सो; निर्विकार; अविकारी.

imp (n) सैतान; □ अवजाळी, आडांगी भुरगो.

impact (n) परिणाम; धपक्याचो नेट; आघात.

impair (v) इबाडप; मोडप; दुर्बळ करप.

impale (v) ख्यास्त म्हणून सुळार चडोवप; भालो तोपप; रोमप.

impalpable (adj) स्पर्श करून समजना असो.

impart (v) (शिक्षण, म्हायती) दिवप; सांगप; (कार्यावळीक पकदस्तपण) हाडप.

impartial (adj) निपक्षपाती; □ मदेस्त; तिरायत.

impassable (adj) वालांडुंक, हुंक जमना असो; जांतल्यान वचप शक्य ना असो (मार्ग).

impasse (n) आडावण; आडबारें; पेंच; घुसपण.

impassioned (adj) उमाळ्याचो; ओगाचो; कळवळ्यान केल्ले (उलावप).

impassive (adj) गर्द; धीर; शांत; उचांबळ जायना असो.

impatient (adj) उचाबळ; आवरणें नाशिल्लो; उतउतो.

impeach (v) ऊंच पावड्यावयल्या अधिकाऱ्याचेर देसघातकेपण वा गैरवर्तन केल्लेखातीर आरोप दवरप; महाभियोग चलोवप; • **impeachment (n)** महाभियोग.

impeccable (adj) पातकापासून मुक्त आशिल्लो; जावंक डल्यान चूक घडना असो; जातूंत मात पूण उणेपण ना असो.

impede (v) आडावप; मना करप; मोडटो घालप; • **impediment (n)** नड; मोहटो.

impel (v) चाळोवन घालप; खूबळावप; धुकलप; मुखार काडप.

impenetrable (adj) रीग मेळना असो; फोडूंक कठीण; समजूंक कठीण; अवघड.

imperative (adj) हुकुमाचो; फर्मावणेचो; चड गरजेचो; □ आज्ञार्थ.

imperceptible (adj) समजूंक शकना असो.

imperfect (adj) अपुरो; अर्दकुटो; दोश आशिल्लो; • **imperfection (n)** अपूर्णताय; दोश; न्यून; उणाव.

imperial (adj) साम्राज्यासंबंदीत; सम्राटासंबंदीत; □ सगल्यांपरस चड; म्हान; तेजवंत; • **imperialism (n)** साम्राज्यवाद; विस्तारवाद; • **imperialist (adj)** साम्राज्यवादी.

imperil (v) संकश्टांत, इपर्तींत, अपदेंत घालप.

imperious (adj) सत्ता गाजोवपाची आवड आशिल्लो; हांव सांगतां तो कायदो म्हणपी; □ गरजेचो.

imperishable (adj) इबाडना असो (म्हाल); □ सासणाक उरसारको; अविनाशी; अजरंवर.

impermanent (adj) तत्पुरतो; खिणयाळो; सासणाक उरचोना असो.

impersonal (adj) व्यक्तीचो संबंद ना असो; व्यक्तीगत रूप असो; (व्याकरणांत) भाववाचक; ज्या क्रियापदाचो तृतीय पुरुशी एकवचनांत वापर जाता अशें (it rains).

impersonate (v) (गूण, सभावाची बी) मुर्ती जावप; गुणान बी मनीसरूप घेवप; □ नाटकांत बी संवंग घेवप; कोण तरी जावप; □ लौकाक नाडूंक बी वा अन्य कारणान दुसरोच जावप; दुसऱ्याच्या नांवान मतदान करप; □ बतावणी करप; • **impersonator (n)** दुसऱ्या मनशाचो मुखडो घेवपी.

impertinent (adj) उर्मट; कोणाक मान दिना असो; मुद्याक सोडून आशिल्लो.

imperturbable (adj) सपसप तापना वा उचांबळ जायना असो; शांत; थंड; गर्द; निर्विकार.

impervious (adj) बोंधो वा चील नाशिल्लो; जांतल्यान कांयच पाझरना वा झिरपना असो; □ मुमखो; कोडगो.

mpetuous (adj) उतउतो; धांदळी; ोसोळ घालपी; ओगाभरशीं कितेंय करपी; उदकाचो लोट) घसघशांनी पडपी.

mpetus (n) बळ; नेट; शक्त; □ ाटबळ; फुर्ती; प्रेरणा.

mpinge (v) आदळप; आपटप; □ ुसऱ्याचे शिमेभितर वचप.

mpious (adj) चुरको वा दयामाया ाशिल्लो; क्रूर; □ अधर्मी; नास्तिक.

mplacable (adj) मोवाळणा असो; पट; जिखूंक कठीण असो.

mplant (v) तकलेंत, मनांत भरप; □ ोप लावप; गार्फ लावप; □ कुडीचे इबाडिल्ले ुवातेर तसलोच दुसरो भाग लावप.

mplement (v) पाळो दिवप; लागू करप; करणेंत हाडप; • **(n)** आवत; अवजार; हत्यार; साधन; उपकरण.

implicate (v) गुन्याव करपांत वांटेकार आसा म्हणून दाखोवप; □ शिरकटावप; • **implication (n)** पोटचो अर्थ; □ सहभाग; आसपाव; संबंद.

implicit (adj) पोटांतलो (अर्थ); स्पश्ट सांगिनासतना सुचयल्लो.

implied (adj) अंतर्भूत; गर्भीत; जातूंत खाशेलो अर्थ आसा असो; अप्रत्यक्ष; □ पुराय (भावार्थ).

implore (v) प्रार्थना, मागणें, विनंती करप; विनोवप; भाकप; काळजांतसावन मागप.

imply (v) संकेत दिवप; सुचोवप; अप्रत्यक्षपणान कळोवप.

impolite (adj) असभ्य; अशिश्ट; उर्मट; अत्रवीद; रीत-रवीस नाशिल्लो.

imponderable (adj) येवजणेपेलो; तर्काभायलो; मेजूंक-मापूंक येना असो.

import (v) म्हाल आयात करप; • **(n)** परदेसांतल्यान आयात केल्लो म्हाल; • **import duty (n)** आयात-पटी; मानडबी.

important (adj) म्हत्वाचो; मोलादीक; गरजेचो.

importunate (adj) फाट सोडिना असो; हिंचण कसो फाटीक लागपी; मागपाची वीद लागिल्लो.

impose (v) (पटी, दंड, ख्यास्त) लावप; लादप.

imposing (adj) (दिसूंक) भव्य; मनांत भरपी; म्हान; आदर निर्माण करपी.

imposition (n) (कर, पटी) लावप; लागप; □ पटी; कर; जकात; मानडबी; □ लादिल्ली गजाल; जापसालदारकी; □ कपट; धोको; □ कोडू कर्तव्य; □ शाळेंतल्या विद्यार्थ्यांक दिल्ली ख्यास्त (शंबर फावटी एक गजाल बरोवपाची).

impossible (adj) अशक्य; असंभवी; कठीण.

impost (n) आयात म्हालावयली पटी; जकात; मानडबी.

imposter (n) दुसऱ्याचें सवंग घेवन फटोवपी; बनावटी; तोतयो.

impound (v) जप्त करप; कायद्यान ताब्यांत घेवप; □ (मार्गार हेडपी गोरवां बी) बंदिस्त करप.

impoverish (v) दळडिराक पावोवप; खांकनवाळ करप; भिकेक लावप.

impracticable (adj) अवेव्हारीक; अशक्य; असाध्य; करूंक जावचोना असो.

imprecate (v) गाळी सवप; शिरापप; मालदिसांव पडूं म्हणून मागप; खेपप.

imprecise (adj) (जोखान वा मापान) जिस्ताजिस्त न्हय असो.

impregnable (adj) अजिंक्य; बळामुखार बागवना असो.

impress (v) म्होर मारप; □ छाप पडप;

छाप घालप; परिणाम करप; • **impression (n)** म्होर; छाप; परिणाम; भावार्थ; निशाण; कुरू; मत; □ आवृत्ती; छापणी; संस्करण.

imprimatur (n) पुस्तक छापूंक मान्यताय वा लिसेंस.

imprint (v) म्होर, शिक्को, छाप मारप; छाप मनार उदेवप; □ लेप काडप; • **(n)** पुस्तकाचेर छापिल्लें प्रकाशकाचें बी नांव.

imprison (v) बंदखणींत घालप; बंदिस्त करप; • **imprisonment (n)** बंदखणीची ख्यास्त; बंदखण.

improbable (adj) शक्यतायेभायलो.

impromptu (adj) ऐन वेळार केल्लें (उलावप); पूर्वतयारी करिनासतना केल्लें (भाशण).

improper (adj) योग्य न्हय असो; धड न्हय अशें (काम); सोबनाशिल्लें.

improve (v) (आपणाक वा दुसऱ्याक) सुधारप; □ वस्त, यंत्र बी सुधारप; उदरगत करप.

improvident (adj) फुडारावशीं चिंतिनाशिल्लो; फुडाराखातीर राखून दवरना असो (पयशे बी).

improvise (v) ऐन वेळार करप; जंयचे थंय भाशण दिवप, गावप बी; □ गरजेक उपकरावप.

impudent (adj) निलाजरो; उर्मट; सुबेज.

impugn (v) आक्षान दिवप; गरज कसली काय विचारप; खर टिका करप.

impulse (n) हुकी; कूय; कींव; ओग; कोल्ल; • **impulsive (adj)** ओगाभरशीं भायर सरिल्लें (उलोवप बी).

impunity (n) ख्यास्तेपासून मेकळीक; कितेय केल्यार ख्यास्त जावचीना अशी स्थिती.

impure (adj) अशुद्ध; म्हेळो; घाणायरो; अपवित्र; • **impurity (n)** म्हेळ.

impute (v) दूशण लावप.

inability (n) अशक्यताय; असमर्थपण.

inaccessible (adj) जंय मेरेन पावप कठीण अशी (सुवात); मेळूंक, समजूंक कठीण (अशी व्यक्ती).

inaccurate (adj) चुको आशिल्लो; बरोबर न्हय असो.

inaction (n) आळसाय; कृती, उपाय करिनासतना रावप; • **inactive (adj)** सुस्त; आळशी; चलना असो; हालचाल करिना असो; निश्क्रीय.

inadequate (adj) पावना असो; अर्दकुटो; पुरतो न्हय असो.

inadmissible (adj) चर्चेक घेवंक येना असो; मानूंक जायना असो; अग्राह्य.

inadvertent (adj) चुकून जाल्लो, घडिल्लो; बळयां करूंक ना अशी (करणी).

inalienable (adj) काडून घेवं नज असो (अधिकार).

inane (adj) सामको पिशेपणाचो; अर्थ नाशिल्लो.

inanimate (adj) प्राण, जीव नाशिल्लो; मेल्लो; □ मंद.

inapt (adj) उपकरनाशिल्लो; कसबी न्हय असो.

inarticulate (adj) आपले विचार वा भावना सारक्यो मांडूंक येना असो.

inaudible (adj) आयकूंक येना असो; सामक्या बारीक आवाजाचो.

inaugurate (v) उक्तावण, उद्घाटन करप; दबाज्यान सुरवात करप.

inborn (adj) मुदलचो; जातक; जल्मासावन फावो जाल्लो; निजाचो.

incalculable (adj) अदमास करूं नज येदें (तुसकान), □ गणटेपेलो; खूब चड.

in camera (adv) बंद कुडींत (चलपी खटलो).

incandescent (adj) प्रदिप्त; तापीन पेटपी (विजे दिवो).

incapable (adj) जाच्यान जायना असो (शिकप; एकादें काम करप); अपंगूळ (कितेंय करपाचे बाबतींत).

incapacitate (v) दुबळो करप; मोडून घालप; अपात्र करप.

incarcerate (v) बंदखणींत घालप; कादयेंत दवरप.

incarnate (adj) मनीस-रूप घेतिल्लो; अवतार घेतिल्लो (देव); हाडामांसाचो; मुर्तिमंत; • **incarnation (n)** मनीस-रुपी अवतार.

incautious (adj) (काम) चिंतिनासतना करपी; चत्राय बाळगिनाशिल्लो; जतनाय घेनाशिल्लो; घळयो.

incendiary (adj) मनांत हेतू बाळगून इमारतींक बी उजो लावपी; लासपी; हुलपावपी; चूड लावपी; पेट घेवपी (बॉम).

incense (v) तिडावप; कोलावप; खुबळावप; • **(n)** धूप; ऊद; वासाचो धुंवर दिवपी जिनस.

incentive (n) उर्बा येवंक केल्ली वा दिल्ली गजाल; फाटबळ; चेतना; इनाम; उल्लूक; हांयस; प्रोत्साहन.

inception (n) आरंभ; करणेची सुरवात.

incessant (adj) (पावस) खळनासतना पडपी; • **(adv)** एकासारको; लागून; धारेन.

inch (n) इंच; फुटाचो बारावो भाग.

in-charge (n) वावर सांबाळपी; जाचेकडेन वावराचीं सुत्रां दिल्यांत तो; जाचेकडेन ताबो आसा तो (वावराचो बी).

incidence (n) ओजें; भार (पडप) □ (धामीचो) प्रादुर्भाव; घडणी; (घडणुकेचे संदर्भांत) प्रभाव; व्याप्ती.

incident (n) घडणूक; गजाल; प्रसंग; घडिल्ली खबर; • **incidental (adj)** ऐन वेळार घडिल्लो (खर्च); अवचीत परगटायल्लो; किरकोळ; खास हेतू वा अर्थान घडूंक नाशिल्ली (गजाल); मदींच येवजल्लो.

incinerator (n) (कोयर वा उपकरनाशिल्लें कितेंय) लासपाचें यंत्र वा खोर्न .

incipient (adj) निकतीच सुरवात जाल्या असो; आरंभाचो.

incise (v) (वैजाचे सुरयेन बी) कातरप; फाळप; • **incision (n)** केल्लें कातरप (सुरयेन वा धारेच्या पात्यान); • **incisive (adj)** (उतरांनी) कातरपी; घाय घालपी; निश्ठूर.

incite (v) चिथावप; खुबळावप; चाळोवन घालप.

inclement (adj) (हवा, वारें) खर; वादळी; वायट; □ दयामाया नाशिल्लो.

incline (v) वणखप; लकप; ब्बाग घेवप; झुकप; • **inclination (n)** बाग; देंवती; लकिल्ली अवस्था; □ कल; ओड; आपलेपण.

include (v) आसपावप; मेळोवन घेवप; • **inclusion (n)** आसपाव; प्रवेस.

incoagulable (adj) गोठेवंक शकना असो.

incognito (adv) अज्ञात रुपान; नांव, भेस बदलून; वळख लिपोवन.

incoherant (adj) (उलोवप, बरोवप) समजूंक कठीण अशें; जाचो सोंपेपणान अर्थ लागना अशें; मेळ नाशिल्लें; असंबद्ध.

incombustible (adj) पेटूंक शकना असो.

income (n) येणावळ; अर्थीक उत्पन्न;

• **incoming (adj)** येवपी; • **incomings (n)** येणावळ; उत्पन्न.

incommode (v) सतावप; त्रास दिवप; सस्तताय इबाडप.

incomparable (adj) सर करूं नज असो; □ अपरूप; चड सोबीत.

incompatible (adj) सांगातान जियेवंक अशक्य अशें (उजो आनी उदक); निजाचे विरोधी; जांचें जुळचेंना देखून झगडटले अशे.

incompetent (adj) अपात्र; अकुशळ; ज्या कामाक जे गूण जाय ते नाशिल्लो; • **incompetence (n)** अकुशळताय.

incomplete (adj) अर्दकुटो; पुराय जावंक नाशिल्लो.

incomprehensible (adj) कळूंक कठीण; गटखळ.

incompressible (adj) दाबान न्हान जायना असो.

inconceivable (adj) कल्पूंक नज असो; चितपायेलो; खरो दिसूंक कठीण.

inconclusive (adj) निर्णयाबगर उरिल्ली (वसका); अनिर्णीत (खेळाचो शेवट).

incongruous (adj) ताळमेळ नाशिल्लो; जुळनाशिल्लो; विखण.

inconsiderate (adj) दुसऱ्याचें मन समजून घेनाशिल्लो; कोणाक मान दिना असो; उमंट; जाका दुसऱ्याचें पडूंक ना असो.

inconsistent (adj) थीर न्हय असो; सातत्य नाशिल्लो; मेळ राखिनाशिल्लो; दर्ज्याचे नदरेन एकेच तेरचो न्हय असो (तयार जाल्लो म्हाल).

inconvenient (adj) त्रासांत घालपी; अडचणीचो; अडचणींत घालपी.

incorporate (v) आसपावन घेवप (घटनेंत नवीं कलमां; शब्दकोशांत नवीं उतरां); □ कायद्यान कंपनी स्थापन करप.

incorrect (adj) चूक; (अर्थ) बरोबर न्हय वा लागना असो.

incorrigible (adj) बाचो सभाव सुधारचो ना वा सुधारूंक येना असो; हाताभायर गेल्लो.

incorruptible (adj) प्रामाणिक; लांच घेना असो (सरकारी नोकर); □ जो इबाडना असो.

increase (v) (संख्येन, आकारान बी) वाडप; वाढोवप; • **(n)** वाड.

incredible (adj) विस्वास बसना असो; खरी दिसना अशी (खबर); पातयेवं नज असो; अशक्यांतलो; अजापाचो.

incredulous (adj) विस्वास बसूंक कठीण असो.

increment (n) (पगारांत बी) वाड.

incriminate (v) (पुरावो) अमकोच मनीस गुन्याव करपांत आसा म्हणून दाखोवप; आरोप दवरप.

incubate (v) (कोंबयेन) खवाणा बसप; यंत्रातल्यान तांतयांक ऊब दिवप (पिलां जावचीं म्हण); **incubator (n)** तांतयांक ऊब दिवपी यंत्रपेट (पिलां भायर सरूंक); पूर्ण काळ जावचे पयलीं जल्मल्ल्या भुरग्याक ऊब मेळची म्हण दवरपाची उबे-पेट.

inculcate (v) (एकादरी गजाल) सारकी समजावप, शिकोवप, मनांत दवरप; (बरी वायट संवय) लावप; केळोवप.

inculpable (adj) निर्दोश.

inculpate (v) (गुन्यांवांत) सांगाताक आशिल्लो म्हणून सांगप; आरोप दवरप; दूशण लावप.

incumbent (n) जाचेर जापसालदारकी पडल्या तो; खाशेल्या कामार आशिल्ली व्यक्ती.

incur (v) दुसऱ्याचो राग वा नाराजी आपले करणेन आपणावटेन ओडप; • **incur debt (v)** रिणांत पडप; रीण माथ्यार घेवप; देणें जावप.

incurable (adj) (संवय, पिडा) निवळचिना अशी.

incursion (n) अचकीत घाल्ली घुरी; दुसऱ्याचे सुवातेर केल्लें आक्रमण; धाड (तोळांची बी).

indebted (adj) रिणांत आशिल्लो; उपकारी.

indecent (adj) असभ्य; पोजडो; रीत नाशिल्लो.

indecision (n) मनाचें अनमनप; धारावणी घेवंक फाटीं-फुडें येवप.

indeed (adv) खरेंच; खऱ्यानीच; म्हणुनूच; म्हणटा तशेंच.

indefatigable (adj) जाका पुरो म्हणून जायना असो; विसव घेनाशिल्लो; रसरशीत; उमेदी.

indefinite (adj) अनिश्चीत; काळवेळ धारावंक ना असो.

indelible (adj) पुसूंक येना असो (छाप); तिगपाचो; उरपाचो.

indelicate (adj) अर्बट; नाजकाय नाशिल्लो; रुक्ष.

indemnify (v) लुसकान जावचें न्हय म्हणून पयलींच हवालो दिवप; लुसकान-भरपाय करप; • **indemnity (n)** लुसकान वा इबाड जाल्यार खर्चाक पडचो न्हय म्हणून दिल्लो हवालो.

indent (v) ल्हान खांच करप; □ परिच्छेदाची पयली ओळ इल्ली चड सुवात सोडून सुरू करप; • **(n)** म्हालाची ऑर्डर.

independent (adj) स्वतंत्र; कोणाच्याच शेकातळा नाशिल्लो; आपले सुवादीन आशिल्लो.

indescribable (adj) वर्णन करूं नज असो; उतरांनी सांगूंक नज वा सांगूंक चड कठीण असो.

indestructible (adj) नाश करूं नज असो; तगपी.

index (n) सुची; जंत्री; नामावळ; मांडावळ; अनुक्रमणिका; • **(adj)** दर्शनी (बोट); • **index number (n)** निर्देशांक.

indicate (v) सुचोवप; बोटान दाखोवप; कुरवेन दाखोवप; • **indication (n)** पूर्वसुची; सुनशा; चिन्न; • **indicator (n)** सुचोवपी; सूचक; दर्शक.

indict (v) एकादऱ्याचेर कायदो मोडला म्हणून आरोप-पत्र दाखल करप; • **indictable offence (n)** कोर्टांत (एकादऱ्याचेर) खटलो चलोवं येता असलो गंभीर गुन्याव.

indifferent (adj) जाका कांयच लागना वा जो लावन घेना असो; सामकोच वायट वा एकदम बरो म्हणूंक येना असो; तटस्थ; जाका होय सारको, तोय सारको असो; उदासीन; पर्वा नाशिल्लो.

indigenous (adj) थळावो; देशी.

indigent (adj) कंगाल; सामको गरीब; खांकनवाळ.

indigestion (n) अजिन्न; अपचन; जिरवण नासप.

indignant (adj) तिडकल्लो; रागार जाल्लो; आपणाचेर अन्याय जाला अशें मानिल्ल्यान संतापिल्लो.

indignity (n) अपमान; स्वाभिमानाक बादा; अनादर.

indigo (n) जाचेपासून नीळ काडटात अशें झाड; नीळ; □ गाड निळो रंग.

indirect (adj) नीट वचना, सरळ वचना असो; आडवाटेचो; □ अप्रत्यक्ष; असवडीं

(उलोवप).

indiscretion (n) चिंतिनासतना वा परिणामाची पर्वा करिनासतना केल्लें काम; • **indiscreet (adj)** शिट्टकसाण बाळगिनाशिल्लो; बडबडपी; जाचेलागीं कांय धरना असो; जो शाणो नय असो.

indiscriminate (adj) ताळतंत्र नाशिल्लो; फाटींफुडें चिंतिनाशिल्लो; घुसपणेंत सांपडलेलो; □ अंदाधुंद (फारपेट).

indispensable (adj) गरजेचो; जिचेबगर जावचें ना अशी (देख : हवा).

indisposed (adj) जाच्या जिवाक बरें दिसना असो; जावें मन लागना असो; भलायकी बरी नाशिल्लो.

indisputable (adj) जाचेविशीं वाद ना असो; सिद्ध जाल्लो; निर्विवाद.

indistinct (adj) स्पश्ट समजना असो; काना-दोळ्यांक सारको कळना असो; अस्पश्ट; अंधूक.

indistinguishable (adj) जावें वेगळेपण वा जाची खेंगैतकाय कळना असो; चडातल्यान वळखूंक जायना असो.

individual (adj) एका मनशासंबंदीत; वेगळो; खेंगैत; स्पश्ट; खाशेलो; • **(n)** एक व्यक्ती; मनीस; • **individuality (n)** व्यक्तित्व; व्यक्तीपण; मनशाचें खाशेलपण.

indivisible (adj) वांटे करूंक येना असो; वेगाळावंक येना असो.

indoctrinate (v) दुसऱ्याक शिकोवप; आपलीं शिकवण जबगीन दुसऱ्याच्या मनांत रिगोवप; माथ्यार थापप.

indolent (adj) आळशी; सुस्त; आदामतीचो; • **indolence (n)** आळसाय; सुस्ती; आदामत.

Indology (n) भारतविद्या.

indoor (adj) इमारतींत भितर चलपी (खेळ बी); • **indoors (adv)** घरांत; घरांत भितर.

indubitable (adj) दुबाव ना असो; खरो; खेंपणाचो; जाचो निर्वाळो दिवं येता असो; निश्चीत.

induce (v) (कितेंय करूंक) फुलोवप; फुसलावप; भुलोवप; □ बीज घोळोवप; • **inducement (n)** हांयस; म्होंवा-बोट.

induct (v) समारंभ करून प्रवेश दिवप (संस्थेंत); भरती करप; मानाचे सुवातेर बसोवप; • **inductor (n)** प्रवर्तक.

indulge (v) जाय तें करूंक दिवप; रमप; खाज भागोवप; भोगप; लाड करप; सदळ सोडप; • **indulgent (adj)** जाय तें करूंक मेकळीक दिवपी; दोश, चुकांकडेन आड्नदर करपी.

industrial (adj) उद्देगासंबंदीत; • **industry (n)** उद्देग-धंदो; कारखानदारपण; • **industrialist (n)** कारखानदार; • **industrial estate (n)** उद्देगीक वसणूक.

inebriated (adj) बेबदो; पियेवन तर्र जाल्लो.

inedible (adj) खावंक उपकरनाशिल्लें; अभक्ष्य.

ineffable (adj) वर्णनापेलो (सोबीतकायेन आनी गुणांनी); अवर्णनीय.

ineffectual (adj) निर्फळ; फावो तो परिणाम घडयना असो; अपेशी; बाद; प्रभाव पालूंक शकना असो.

inefficient (adj) वावराक मेंगो; सारकें काम करिना असो; अकार्यक्षम (यंत्रणा).

ineligible (adj) अपात्र; पात्रताय येवंक ना अशी व्यक्ती; अयोग्य (पिरायेचे नदरेन).

inept (adj) अकुशळ; मूर्ख; अयोग्य; अन्नाडी; बाबत; कामाक उपकरना असो.

inert (adj) आळशी; सुस्त; हालचाल

करिना असो; • **inertia (n)** आळसाय; सुस्ती; जडाय; जडसाण; दुसऱ्यान हालयले बगर हालचाल करिना अशी अवस्था.

inescapable (adj) चुकोवंक, वाटावंक येना असो; जाचेपासून सुटका ना असो.

inestimable (adj) मेज-माप करूंक येना असो; अदमास करूंक, बारूंक कठीण असो; खूब चड.

inevitable (adj) जाचेपासून सुटका ना असो; घडचेलोच.

inexact (adj) चुकीचो; सारको वा बराबर न्हय असो; जिस्ताजिस्त न्हय असो; तस्सो न्हय असो.

inexcusable (adj) जाका भगसणी फावना असो; अक्षम्य.

inexhaustible (adj) सोंपचोना, सोंपना असो.

inexorable (adj) निर्दय; कठोर; फातरा काळजाचो; काना-मनार घेना असो.

inexpensive (adj) खर्चीक न्हय असो; सवाय; दरेक उणो.

inexperience (n) नेणारपण; अणभव नासप.

inexpert (adj) अकुशळ; तज्ञ न्हय असो; सारकें तंत्र खबर नाशिल्लो.

inexplicable (adj) समजावंक गूढ असो; जाचें कारण कळना असो; जो समजना असो.

inextinguishable (adj) पालोवंक येना असो (उजो).

inextricable (adj) जाचेपासून वांचप कठीण असो; जें सोडोवन मेकळें करून जाग्यार घालूंक जावचेंना अशें.

infallible (adj) खात्रीचो; पातयेवपासारको; चूक करिना असो; □ अचूक; पक्को.

infamous (adj) नांव घाणायल्लो; नावाडगो; दशा वगडायल्लो.

infancy (n) (पिरायेचें) ल्हानपण; बालपण; सुरवातीचो काळ; • **infant (n)** बाळक; ल्हान भुरगें; अर्भक.

infantry (n) पांयदळ.

infatuate (v) मोगान पिसो जावप; मोगा-पिशें लागप; सामको भुलून वचप.

infect (v) वसो पातळप; जंतूंची लागण जावप; जंतूंक लागून इबाडप; • **infection (n)** पिडेचो वसो; कसलोय वसो; दुसरो करता तें दोळे धांपून आपणेंय करपाची वज.

infer (v) तर्क करप; अर्थ काडप; ताडप; • **inference (n)** अनुमान; निश्कर्श.

inferior (adj) पांवड्यान सकयल्लो; म्हत्वान उणो; हलको; उणाक; तळाकडलो; • **inferiority complex (n)** न्यूनगंड.

inferno (n) नरक; यमकोंड; • **infernal (adj)** नरकासंबंदीत.

infertile (adj) (जमीन) पडंग; जी पीक दिना अशी; वांज; नापीक; • **infertility (n)** वांजपण.

infest (v) (सतावपी, रोग पातळावपी जीव जंतूंनी वा चोरांनी) व्यापप; भरून वचप.

infidel (adj) नास्तिक; धर्मांविशीं भावार्थ नाशिल्लो; दुसऱ्या धर्मांतलो; □ घोवाक वा बायलेक विस्वासू न्हय अशी (व्यक्ती).

infighting (n) (राजकी पक्षांतलीं बी) भितल्लीं झंगडीं.

infiltrate (v) (वायट वा खाशेल्या इराद्यान) दुसऱ्याच्या प्रदेशांत, जाग्यांत रिगप; राजकीय पक्षांत रिगप; □ गाळप; गळप; पाझरप; झिरपप; घुसप.

infinite (adj) अंतपार नाशिल्लो; गणटेपेलो; अनंत; • **infinity (n)** अनंतत्व.

infirm (adj) अशक्त; दुर्बळ; लडलडशी.

inflame (v) उजो लावप; पेटोवप; कोलावप; खुबळावप; • **inflammable (adj)** सोपेपणी पेट घेता असो; • **inflammation (n)** भगभग; जाळ; हुलप; जळजळ.

inflate (v) फुलप; फुलोवप; सुजप; □ (टायरांत बी) वारें घालप; खोशी करप; मोल चडोवप; • **inflation (n)** सूज; □ नेट; तवक; □ चलनवाड; म्हागाय.

inflect (v) उलयतना आवाज वाडोवप वा दैवोवप; (व्याकरणांत) उतरांत बदल घडोवप.

inflexible (adj) जो बाग घेना वा वें म्हणिना असो; (चिंतपांत) धीर.

inflict (v) (स्यास्त) लावप, दिवप, लादप; (धपके) घालप.

inflorescence (n) खांदयेचयल्या फुलाची माडावळ; खांदयेचयली फुलां.

influence (n) प्रभाव; वजन; सत्ता; प्रतिश्ठा; • **influential (adj)** प्रभावी; वजनादीक; मानभोवमान आशिल्लो; प्रतिश्ठीत; जाचें समाजांत चलता असो.

influenza (n) (पो) फ्लू; थंडी, जोर आनी आंगाचे फोडाफोडीची पिडा.

influx (n) लोंट; झोत (मनशाचो बी).

inform (v) सागप; म्हायती दिवप; कळोवप; गमोवप; • **informant (n)** खबरी दिवपी; • **information (n)** म्हायती; खबर; • **informative (adj)** म्हायती दिवपी.

informal (adj) सादो; उपचारीक नव्हय असो; अनुपचारीक; नेमांक धरून नव्हय असो; अधिकृत नव्हय असो.

infraction (n) कायदेभंग; कायदो, नेम मोडप.

infrequent (adj) चुकून वा केन्नाय घडपी; □ विरळ; पातळ.

infringe (v) (कायदो) मोडप; (कायद्या)आड वचप.

infructuous (adj) फळादीक नव्हय असो.

infuriate (v) राग हाडप; पिस चाळोवप.

infuse (v) (कित्यांतूय) जीव, प्राण फुंकप; □ (मळमळीत उदकांत च्याचो पालो) घालप.

ingenious (adj) चतूर; प्रवीण; फिशाल; नवो सोद लावपी; □ हिकमती; कारस्थानी.

ingenuous (adj) सादो; सरळ; भोळो; बाबडो; अणभव नाशिल्लो.

ingest (v) गिळप; आंगांत जिरोवप.

ingot (n) भांगराची, रुप्याची बी लगडी.

ingrained (adj) पाळां घेतिल्लो; मनार कोरांतिल्लो; खोल रुजिल्लो.

ingratiate (v) पांगेंत रावप; बरेपण जोडप.

ingredient (n) घटक; ज्या जिनसांची मेळाय केल्या तांतलो एक जिनस; मसाल्यांतल्या विंगड-विंगड जिनसांतलो एक.

ingress (n) भितर सरचेलें दार; प्रवेस; भितर सरपाचो अधिकार.

inhabit (v) रावतिका करप; रावप (घरांत, देसांत); वसती करप; • **inhabitant (n)** रावपी, वसती करपी; निवासी.

inhale (v) स्वास घेवप.

inherent (adj) सभावीक; आंगांतलो.

inherit (v) दायज मेळप; येरांस मेळप; जाणट्यांचे गूण-दोश सभावांत घोळप; परंपरेन मेळप; • **inheritance (n)** दायज; येरांस.

inhibit (v) (कितेंय करतना दुसऱ्याक) आडावप; मना करप; •

inhibition (n) मनाय; अनमनणी; भीड.
inhospitable (adj) जो (सोयऱ्यांचो) सत्कार वा भोवमान करिना असो; जो पावणार दिना असो.
inhuman (adj) क्रूर; निर्दय; दयामाया नाशिल्लो; मनीसपण सोडिल्लो.
inhumane (adj) निर्दय; क्रूर.
inimical (adj) दुस्मानकायेचो; वैरीपणाचो.
inimitable (adj) नक्कल करूंक येना असो; सुमाराभायर बरो.
initial (adj) सुर्वेचो; मुळावो; • **initials (n)** नांवाचीं पयलीं अक्षरां; ल्हान निशाणी; • **initially (adv)** सुर्वेक; आरंभाक; • **initiate (v)** सुरू करप (येवजण बी); संस्थेंत नवो वांगडी म्हणून घेवप; दिक्षा दिवप; • **initiation (n)** दिक्षा; प्रवेश; • **initiative (n)** सुरवात; पयलें पावल; आपलेआपूण निर्णय घेवपाची तांक; □ उपक्रम; • **initiator (n)** प्रवर्तक.
inject (v) इंजेसांव करप; इंजेसांवान कुडींत वखद घालप; • **injection (n)** (घो) इंजेक्शन.
injunction (n) कोर्टाचो मनाय हुकूम, आदेश; निषेधाज्ञा.
injure (v) दुखापत करप; लुसकान करप (पतीक, नांवाक); • **injurious (adj)** अपाय करपी; वायट करपी; • **injury (n)** इजा; दुखापत; □ लुसकान.
injustice (n) अनीत; अन्याय; जुलूम.
ink (n) शाय; तींत; इंक.
inkling (n) दुबाव; सुलूस; पूर्वसुची; □ कल; ओड; लकणी.
inland (n) दयदिगेसावन बरोच भितल्लो प्रदेस; • **inland (letter) (n)** अंतर्देशीय (पत्र).
in-law (n) लग्नसंबंदान जाल्लो नातेवर्गी.
inlay (n) कित्याचोय तळ कोरांतून केल्ली कंगरखीस; नक्षी; • **(v)** भांगराचे वस्तींत थीक बसोवप; भितर लावप.
inlet (n) रीग; भितर सरपाची वाट; ल्हान खाडी.
inmate (n) (बंदखणींतलो) निवासी; (हॉस्पिटलांतलो) निवासी.
inn (n) भोंवडेकारापासत जेवपा-रावपाची साळ; वसतेघर.
innate (adj) सैमीक; निजाचो; सभावीक; आपसूक.
inner (adj) भितल्लो; □ मनांतली (गुपीत गजाल).
innocence (n) नेणारपण; निर्दोशपण; भोळेपण; बाबडेपण; सादेपण; • **innocent (adj)** नेणार; अजाण; सादो; भोळो; निरपराधी.
innocuous (adj) उपद्रव करिनाशिल्लो; निरुपद्रवी; वायट करिना असो.
innovation (n) नवी मांडावळ; नवी रीत; नवी प्रथा.
innumerable (adj) संख्येन खूब; मेजूंक येना असो.
inoculate (v) वासीन करप.
inoffensive (adj) सज्जन; निरुपद्रवी; जाचेपासून कोणाक पिडा जायना असो.
inoperable (adj) शस्त्रक्रिया करूंक फावना असो.
inoperative (adj) चलना तसलो; परिणाम करना तसलो.
inopportune time (n) आडवेळ.
inordinate (adj) आटापाक येना असो; सुमाराभायलो.
inorganic (adj) जीवसृश्टीपरस वेगळो; निर्जीव.
in-patient (n) हॉस्पिटलांत भरती

जाल्लो पिडेस्त.

input (n) यंत्राक घाल्ली खावड (वीज, तेल वी).

inquest (n) अचकीत जाल्ल्या मरणाची कायद्यान चवकशी.

inquire, enquire (v) विचारप; खबर काडप; खबर घेवप; चवकशी करप; सोदपूस करप.

inquisition (n) धर्मीक न्यायालय; □ चवकशी; □ वामपूस; • **inquisitive (adj)** जायण्यो करपी; कोणागेर कितें कात शिजता तें हुंगपी; बारिकसाणेचो.

inroad (n) दुस्मानाच्या प्रदेशांत अचकीत घाल्ली धुरी.

insane (adj) तकलेन सारको ना असो; चळ लागिल्लो; (चितप) मूर्खपणाचें; • **insanity (n)** चळ; बुद्धीभ्रश; मूर्खपण.

insanitary (adj) घाणयारो; हळांशकावणो; बुरसो.

insatiable (adj) जाचीं भूक भागना असो; वसवसो; वाखावाख; तृप्त जायनाशिल्लो.

inscribe (v) (उग्पासारकें) बरोवप; कोरांतप; • **inscription on the stone (n)** पाशाण-बरप.

inscrutable (adj) समजूंक कठीण; जाचो थाव लागना असो; रहस्यमय; घट्टबंद्यांचो.

insect (n) कीड; किडो; बारीक जीव; • **insecticide (n)** किडी, जीव वी मारपाचें वखद.

insecure (adj) राखण नाशिल्लो; सुगू नश्य असो; आत्मविस्वास नाशिल्लो; अधीर; चंचल.

inseminate (v) बीं रुजोवक घालप; रोवप; कृत्रीम गर्भधारणा करप.

insensate (adj) मूर्ख; जाका पेल्याचो चुरको ना असो; दुस्ट.

insensible (adj) सूद वगडायल्लो; दुख बादनाशिल्लो; धुंग नाशिल्लो; सयराणाभायरो.

inseparable (adj) वेगळावं नज असो; कुशीक काळूंक नज असो.

insert (v) भितर घालप (पयशे मिलेरांत; जायगात पेपरांत वी); □ खोंवप; रोमप; रिगोवप.

inset (n) भितर घाल्ली वस्त; वाडल्ल्या चित्रांत वा फोट्यांत कोनशाक घाल्लें दुसरें ल्हान चित्र, फोटो.

inshore (adj) देगेकडेन, कांठावटेन आशिल्लो.

inside (n) भितल्ली बाजू; भितल्ली वट; भितल्लो वांटो; • **(adj)** भितल्लो.

insidious (adj) कपटी; घातकी; फटोवन घात करपी.

insight (n) सारकी समजणी; खरेलो अर्थ समजुपाची तांक; खोल नदर; बारिकसाण; अंतर्ज्ञान; मर्मदिश्ट.

insignia (n) हुद्दो, अधिकार दाखोवपाचीं चित्रां (मुकूट, राजदंड वी); निशाणी (छातयेर वी लायतात ती).

insignificant (adj) अर्थ नाशिल्लो; दमडे मोलाचो; किरकोळ; कुसकुटाचो; म्हत्व नाशिल्लो; किकोत.

insincere (adj) अप्रामाणिक; भितर एक भायर एक असो.

insinuate (v) दुखपासारकें, लागपासारकें अपत्यक्ष रितीन सांगप; □ चलाखेन रीग मेळोवप; लेंगलेंग करून बरेपण जोडप; मोन्यानी कार्य सादप.

insipid (adj) रूच नाशिल्लो; सयसुवाद, आतसाण-पातसाण नाशिल्लो; पचपचीत.

insist (v) नेटान वा अगत्यान सांगप; सांगलां ताका धरून रावप; आग्रो धरप;

• **insistence (n)** आग्रो; हट; जिद्द.
insolate (v) वताक उकतो दवरप.
insolent (adj) मस्तो; उर्मट; वडिलांचो बी अपमान करपी.
insoluble (adj) विरगळना, विरना असो; □ (प्रस्न) सोडूंक येना असो.
insolvent (adj) दिवाळें काडिल्लो; रीण फारीक करपाची ऐपत नाशिल्लो; बांकरूट; खांकनवाळ.
insomnia (n) न्हीद पडना जावप; जागरण; न्हीद खळपाची पिडा.
inspect (v) तपासप; बारिकसाणेन पळोवप; पडटाळो घेवप; • **inspection (n)** निरिक्षण; परिक्षण.
inspire (v) फुडें सरूंक बळ दिवप; फुर्ती दिवप; प्रेरणा दिवप; उमेद दिवप; (दुसऱ्याचो) आत्मविस्वास वाडोवप; • **inspiration (n)** प्रेरणा; फुर्ती.
instability (n) अथीरताय; चंचलपण; अस्थैर्य.
install (v) आसनार बसोवप; स्थानापन्न करप; अधिकार सुपूर्द करप; □ (यंत्र) बसोवप; जोडप; • **installation (n)** (मुर्तीची) स्थापना; प्रतिश्ठापना; • यंत्रणा बसोवप; कारखान्यांत बी यंत्रसामुग्री बसोवप.
instalment (n) देण्याचो हप्तो; बरपावळीची खिस्त.
instance (n) खीण; वेळ; □ देख; पत; उदाहरण.
instant (adj) तत्काळ; त्याच खिणाक करपाचो, जावपाचो बी; □ चालंत; चलता तो; • **(n)** खीण; घटका; तूर्त; • **instantly (adv)** आतांचे आतां; ह्या खिणाक; रोखड्या रोखडो; बेगोबेग.
instead (adv) (ताचे) बदला; (ताचे) वांट्याचो.
instigate (v) भितल्ल्यान (वायट कामाक, बंडाक) फाटबळ दिवप; कोमार काडप; करूंक फुलोवप; मुखार काडप; फाटबळ दिवप.
instil (v) (विस्वास) मनांत भरप; थेंबथेंब घालप.
instinct (n) अंतर्बोध; मनाची सांगणी; सभावीक गिन्यान; जल्मजात जाण.
institute (n) संस्था; संघटना; □ शिक्षण संस्था; □ संस्थेची इमारत; • **(v)** स्थापन करप; सुरू करप; • **institution (n)** प्रतिष्ठापन; संस्थेचो वावर चलता ती इमारत; □ प्रथा (विद्यालयांत बी).
instruct (v) शिक्षण दिवप; शिकोवप; तयार करप; □ सुचोवप; सांगप; आज्ञा करप; मार्गदर्शन करप; • **instruction (n)** आज्ञा; आदेश; सुचोवणी; □ विद्यालयांतलें शिक्षण; • **instructions (n)** (यंत्र कशें चलोवचें हाचें पुस्तक रुपान) मार्गदर्शन; सुचोवण्यो.
instrument (n) ल्हान आवत, उपकरण; आयूद; □ वाद्य; वाजंत्र; □ दाखलो; सरकारी कागदपत्र; कबलात; थारावणी.
instrumental (adj) (काम) जाका लागून जालां असो; कारणीभूत; □ वाद्यान काडिल्लो (आवाज); • **instrumentalist (n)** वाद्य वाजोवपी संगीतकार; • **instrumentation (n)** वाद्यरचना.
insubordinate (adj) उर्मट; आज्ञा, नेम पाळिना असो (चाकरेंत आसतना).
insubstantial (adj) सार नाशिल्लो; तथ्य नाशिल्लो; पुश्टी दिवपी न्हय असो.
insufficient (adj) उणो; अर्दकुटो; पावना असो; पुरतो न्हय असो; अपुरो.
insular (adj) जुंव्यासंबंदीत; जुंव्यार रावपी; □ एकमुळो.
insulate (v) वेगळावप; कुशीन काडप;

वीज वा तापेची बादा आड्यांव; • **insulator (n)** विजेचो प्रवाह करना अशी वस्त.

insulin (n) (घो) इन्सुलीन; रगतांतले साखरेचें नियमन करपी द्रव (वखद).

insult (v) अपमान करप; अनादर करप; तुच्छ लेखप; • **(n)** अपमान; अनादर.

insuperable (adj) (एकादरो प्रस्न) सोडोवंक, मेटोवंक कठीण, शक्य ना असो.

insupportable (adj) सोंसूं नज असो; पेलूं नज असो; सोंसूक फावना असो; सोंसपापेलो.

insure (v) विमो काडप, उतरावप; □ खात्री करप; निश्चीत करप; सुगूर करप; • **insurance (n)** विमो; • **insurance policy (n)** विम्याचो पॉलिसी; • **insured (n)** जाचो विमो काडला तो; • **insurer (n)** विम्याची कंपनी वा एजंट.

insurgent (n) बड करपी; विद्रोही; सरकाराआड उठाव करूंक फुडें सरपी; • **insurgency (n)** बंड; उठाव.

insurrection (n) सरकारआड उठाव; बंड; विद्रोह.

insurmountable (adj) वालांडूंक नज वा अवघड अशी (अडचणी); निवारूंक कठीण अशी (मकश्ट); सोडोवंक, मेटोवंक कठीण असो (प्रस्न).

insusceptible (adj) (हातापाया पडल्यार लेगीत) परिणाम जायना असो; गर्द; बदना असो; बाडगना असो.

intact (adj) आसा तस्सो; जथापथ; शाबूत; सुगूर.

intake (n) कितेय भितर घेवप (अन्न-उदक पोटांत घेवप; विद्यार्थ्याक विद्यालयांत प्रवेस दिवप; न्हयचें उदक पाटात भितर घेवप); प्रवेशाचें प्रमाण.

intangible (adj) दिसना, स्पर्श करूंक येना इतलो बारीक.

integer (n) पुर्णांक; पूर्ण संख्या; अखंड कितेंय.

integral (adj) सगळो; पुराय; □ कित्याकूय पूर्णत्व दिवपी (भाग); समग्र; ससलो.

integrate (v) मेळप-मिसळप; वेगळेचाय विरयत भरसप; एकवटप; • **(adj)** एकवटीत; • **integration (n)** मेळ; मीलन; एकवट; एकीकरण; एकात्मीकरण.

integrity (n) प्रामाणिकपण; अजू चलणूक; शील; सत्यनिश्ठा; □ समग्रता; अखंड रूप; एकात्मता.

intellect (n) बुदद; प्रज्ञा; विचार करचेली ताक; प्रतिभा; • **intellectual (adj)** बुदद्दीमंबदीत; प्रज्ञेसंबदीत; विचारासंबदीत; □ समाजिकायेचो; बुदवंत; विद्वान; • **(n)** विचारवंत; प्रज्ञावंत; • **the intellectuals (n)** विचारवंत वर्ग; विद्वान लोक.

intelligent (adj) बुदवंत; बुदद्दीन हुशार; समाजिकायेचो; • **intelligence (n)** बुदद; प्रज्ञा; समाजिकाय; तर्कशक्त; बुदवंतकाय; □ भितल्ली खबर, बातमी; सुलूस; • **intelligence department (n)** गुप्तचर विभाग; • **intelligence quotient (IQ) (n)** बुदद्दीचे नदरेन व्यक्ती कशी आसा तें दाखोवपी आंक वा माप; बुद्दगुणाक; • **intelligentsia (n)** बुदवंत वा सुसंस्कृत वर्ग.

intelligible (adj) कळ्सारको; समजुपासारको; • **intelligibility (n)** समजुपाची तांक; आकलनक्षमता.

intend (v) हेत बाळगप; बेत करप; इत्सा बाळगप; धारावप; मनांत अर्थ काडप; मोख धरप; • **intent (adj)** जाणें धारायलां असो; जाणें बेत केला असो;

• (n) हेत; बेत; तजवीज; संकल्प; • **intention** (n) हेत; बेत; थारावणी; इरादो; मानस; • **intentional** (adj) मुजरत केल्लें, घडयल्लें बी.

intense (adj) सामकी चड (ताप); उमळशिकेचो; खर; • **intensity** (n) खरसाण; कडकसाण; तवंक; • **intensive** (adj) प्रखर; जबरदस्त; दक्षतायेन घेतिल्ली (जतनाय); दवरलेली (नदर); • **intensive care unit** (n) हॉस्पिटलांतलो अती जतनाय विभाग.

inter (v) पुरप; निखिपप; गाडप; दफन करप; • **interment** (n) दफन; निखिपणी; मडें पुरप (कृती).

interact (v) व्यक्तींव्यक्तींभितर उठप, बसप, मेळप बी जावप; विचार बी दिवपा-घेवपाचे संबंद वाडोवप.

intercaste (adj) आंतरजातीय.

intercede (v) मदीं पडप; मदेस्ती करप; एकल्याचे वतीन दुसऱ्याकडेन मागप; • **intercession** (n) मदेस्ती; दुसऱ्याचे गुजारतीन केल्ली मागणी.

intercept (v) वाटेर आडावप वा धरप; • **interception** (n) आडखळ; व्यत्यय; वाटेर केल्ली आडावणी.

interchange (v) अदलाबदल करप; आपसांत बदलप; पाळयेन काम करप; एकल्याच्या जाग्यार दुसऱ्यान येवप; • (n) अदलाबदल.

intercollegiate (adj) आंतरमहाविद्यालयीन (नाटकां सर्त बी).

intercom (n) अंतर्गत संपर्काचो फोन.

intercontinental (adj) आंतरखंडीय.

intercourse (n) मनशांमनशां मजगतीं वा देशांमजगतीं वेव्हारीक संबंद; संपर्क; वेव्हार; □ संभोग; समागम.

interdependent (adj) एकामेकांचेर आधारून, निंबून आसात अशे (मनीस, देश बी).

interest (n) हितसंबंद; सुवार्थ; □ रूच; खोशी; अगत्य; □ कळंतर; व्याज; □ वांटो; अधिकार; □ बारिकसाण; जायणी; अगत्य; • **interesting** (adj) समजून घेवपासारको (प्रसंग); लक्ष ओडून घेवपी, मन लागता अशें (पुस्तक).

interfere (v) दुसऱ्याची जायणी करप; आपयनासतना दुसऱ्याच्या वेव्हारांत मदीं पडप; मदीं पडून आडावप; आडावण जावप; • **interference** (n) लुडबूड; मदीं पडून केल्ली आडखळ; मेतेर जावप.

interim (adj) अंतरीम; तुर्तापुरतो; मदल्या काळापुरतो; थोड्या वेळापुरतो; अस्थायी.

interior (n) भितल्लो भाग; अंतरंग; • (adj) भितल्लो; अंतस्थ; • **interior decoration** (n) भितल्ली सजावट.

interject (v) दुसरो उलयतना मदींच उलोवप; दुसरो उलयतना मदींच उलोवन ताका तोडप; • **interjection** (n) अजाप, दुख्ख, आनंद बी व्यक्त करूंक वापरचेलें उतर वा उतरां.

interlock (v) एकामेकांक जोडप.

interlude (n) मदलो वेळ; मदली सुटी.

intermediary (adj) मदेस्त; किजील, वितुश्ट मेटोवपी; मदेस्ती करपी.

intermediate (adj) मदलो; माध्यमिक; दोन वर्गांमदलो; • (n) मदली वस्त; • (v) मदेस्ती करप.

interminable (adj) सरना असो; अंतपार नाशिल्लो.

intermission (n) दोन प्रवेश वा अंकांमदलो वेळ; सिनेमांत मदली सुटी; कार्यावळींत मदलो रजेचो वेळ.

intermittent (adj) येवचो-वचचो;

ओलांड करून येवपी (पावस); मदींच थांबून परत सुरू जावपी.

intern (v) दुसऱ्यावेळार विरोधी राष्ट्रांतल्या नागरिकांक स्थानबद्ध करप; • (n) निकतीच डॉक्टरकी पास जाल्लो हॉस्पिटलांत रावन सेवा दिवपी डॉक्टर; प्रशिक्षण घेवपी शिक्षक वा विद्यार्थी; • **internment** (n) नदरबंदी.

internal (adj) अंतर्गत; कुडीक भितर जाल्ली (दुखापत); (२) देशातलो भितल्लो (प्रस्न); □ कुटुंबांतलें (झगडें).

international (adj) अंतरराष्ट्रीय; राष्ट्रांराष्ट्रांमजगतचो; • **internationalism** (n) आंतरराष्ट्रीयत्ववाद.

internee (n) स्थानबद्ध व्यक्ती.

interpellation (n) चर्चेंत मदींच उपस्थापन जाल्ल्या प्रस्न; (विधानसभेतलो) उपप्रस्न.

interpolate (v) आदल्या गथानी नवेंच किते तरी घुसडप (लोकाच्या मनात भ्रम निर्माण करूंक).

interpose (v) (दोन जिनसामदीं) घालप वा घुसडप; मदीं येवप वा पडप, चर्चा बंद पडपी म्हणून मदींच नमते प्रस्न करप, आडखळ हाडप; मदी पडप; मदेस्ती करप; मदींच उलोवप.

interpret (v) अर्थ सांगप, भावार्थ सांगप; अर्थ लावप; आपणाक समजला तो अर्थ सांगप; (२) दुभाशाचें काम करप; भाशांतर करप; उलगडो करप; • **interpretation** (n) फोडणशी; उलगडो; भाश्य; आपणाक समजला तसो अर्थ सांगप (कृती); कित्याचोय लाधिल्लो अर्थ (जो बरोबर तसो चुकूय आमूक शकता); • **interpreter** (n) दुभाशी; फोडणशी करपी; भाशांतर करून सांगपी.

interrelation (n) परस्परसंबंद.

interrogate (v) प्रस्न विचारप; चवकशी करप; आरोप्याक प्रस्न विचारून तपासणी करप; • **interrogation** (n) प्रस्न विचारप (कृती); तपासणी; चवकशी; □ प्रस्नचिन्न.

interrupt (v) मदींच आडखळ हाडप; आडखळ येवप; मदींच बंद करप; थोड्या वेळापुरतें बंद करप; • **interruption** (n) बादा; आडखळ; विघ्न; कांय काळापुरतें आडमेळें.

intersect (v) (रस्तो, ओळ) मदींच कातरप; भेतप; छेदप.

intersperse (v) ठांयठांय शिवरप; एक वस्तू दुसऱ्या वस्तूंमदीं उडून दिसमारकी, जिस्त बससारकी भरसप, आसपावप.

interval (n) (शाळेंत) मदली सुटी; मदलो वेळ; (दोन गजालींत) मदलें अंतर; (दोन वस्तू) मदली सुवात; □ नाटकां-सिनेमांतलें मध्यंतर.

intervene (v) मदीं येवप, पडप (झगडे पार्लेचेक बी); (जायतो काळ) मदीं वचप; (२) दोन बादाबळींमदीं आमप; □ मदेस्ती करप; चलतले चर्चेमदीं उलोवन वांटो घेवप.

interview (n) (घो) इंटरव्यू; मुलाखत; भेट; नोकरेखातीर अर्ज करतल्यांचो तोंडी परिक्षा, चांचणी; • (v) मुलाखत घेवप; तोंडी चाचणी घेवप; • **interviewee** (n) मुलाखत दिवपी; • **interviewer** (n) मुलाखत घेवपी.

intestate (n) मृत्युपत्र करून दवरूंक ना अशी मेल्ली व्यक्ती; • (adj) मृत्युपत्र दवरिनासतना मेल्लो.

intestine (n) आंत; आंतकडी.

intimacy (n) दाटी; संवकळ; चड आपलेपण; दाट संबंद; घसट; □ खासगत संबंद (व्यभिचार); • **intimate** (adj)

आपलो; लागींचो; जीवनकळेचो (इश्ट); • (v) कळोवप; खबर पावोवप.

intimidate (v) (अमकें कर वा करूं नाका म्हणून सांगतना) भेश्टावप; भय घालप; धमकी दिवप; धेंक घालप; • **intimidation (n)** धमकी; भय घालून दिल्ली शिटकावणी.

intolerable (adj) सोंसूं नज अशी (दूख); सोंसणिकायेचेर ताण घालपी (सभाव); • **intolerant (adj)** जाका आपल्या मतापरस वेगळें मत सहन जायना असो; अनुदार; असहिश्णु.

intonation (n) सूरमेळ; □ गाणें; गायन; आलाप; तान; हेल.

in toto (adv) पुरायेन; आख्खो; सगल्यासगलो.

intoxicate (v) माणें लावप; पियेवंक घालप; तर्र करप; बेबदो करप; उन्माद हाडप; तकलेक चडप.

intractable (adj) आटापा येना असो; आपल्या वाद्याचो; कानामनार घेना असो; हटी; आडांगी; तोंडान सुबेज; उर्मट.

intransigent (adj) कसोच आयकना असो; हटी; मेळटें-जुळटें घेना असो; जिद्दी; आपसुलाद.

intravenous (adj) शिरंत्रांसंबंदीत; शिरांचो; शिरेचें (इंजेक्शन).

intrepid (adj) शूर; निर्भय; धाडशी; धीट; भियेना असो.

intricate (adj) किचकनडीचो; घुसपणेचो; घट्टबंद्यांचो; सोपो-सरळ न्हय असो.

intrigue (n) कारस्थान; कूट; कंवटाळ; • (v) कारस्थान रचप; • **intriguer (n)** कंवटाळी; कवायती.

intrinsic (adj) निजाचो; बडीचो; मुदलाचो; आंगाचो; मूळचो.

introduce (v) (व्यक्तीची) वळख करून दिवप; लोकांमुखार (वस्त) मांडप; तयार केल्लो म्हाल पयले फावट बाजारांत घालप; सादर करप; • **introduction (n)** वळख; परिचय; प्रवेस; □ प्रस्तावना; सादरीकरण.

introspect (v) आत्मनिरिक्षण करप; आपणें आपणाक तपासप.

introvert (adj) आपल्याच चिंतनांत गुल्ल आसपी; अंतर्मूख; भिडेस्त.

intrude (v) नाका आसतना वा आमंत्रण नासतना दुसऱ्यागेर वचप; बळयां वचप; • **intruder (n)** दुसऱ्यांच्या घरांत घुसपी; घरफोडो; □ आगांतूक.

intuition (n) अंतर्ज्ञान; अंतर्बुद्द; कसलोय प्रस्न समजुपाची निजाची तांक.

inundate (v) हुंवार येवप; हुंवारांत बुडप; बुडून वचप; बुडटी येवप.

inure (v) (वायट परिस्थितीची, हवामानाची) संवकळ जावप; संवय लावप.

invade (v) धाड, घुरी घालप; हल्लो करप; आंगार पडप; आक्रमण करप; • **invasion (n)** घुरी, आक्रमण.

invalid (adj) (मतां) मोल नाशिल्लीं; जीं चलचीं नात अशीं; रद्द; □ (मनीस) पिडेस्त; दुबळो; अपंगूळ.

invaluable (adj) अमोलीक; मोलादीक; मोलावं नज असो.

invariable (adj) थीर; बदलना असो; निश्चल; • **invariably (adv)** बदल करिनासतना, चुकयनासतना.

invective (n) गाळी-फस्ती; अपशब्द; गाळी-फस्तींनी भरिल्लें भाशण.

inveigh (v) लागसारकें उलोवप वा बरोवप; खर निंदा करप.

inveigle (v) फुसलावप; भुलोवप; हांयस दाखोवन फटोवप.

invent (v) नवो सोद लावप; नवें कल्पप; □ (फटीची गजाल) रचप; • **invention** (n) नवो सोद; □ रचिल्ली गजाल; तड्डक. **inventory** (n) घरांतल्या बी वस्तूंची तपशिलान जंत्री.

inverse (adj) उरफाटो; परतो; • **invert** (v) आरतो आसा तो परतो करप; वयली बाजू सकयल आनी सकयली वयर करप.

invertebrate (adj) फाटी-कणो नाशिल्लो (प्राणी); □ तांक नाशिल्लो; मोब; दुबळो.

invest (v) दुदू फायद्याखातीर घालप (धंद्यात वा शेअरांत बी); □ हुद्दो अर्पण करप; □ न्हेसोवप; रेवाडो घालप; • **investment** (n) व्यापार-धंद्यात घाल्लो पयसो; विनियोग; गुंतवणूक.

investigate (v) (गुन्यावाची) चवकशी करप; तपासप; सोद घेवप; • **investigation** (n) तपास; अन्वेशण; • **investigator** (n) तपास अधिकारी.

investiture (n) प्रतिश्ठापना; आसनार दबाज्यान बसोवप.

inveterate (adj) (रोग) पोरणो; खोड वचना असो.

invidious (adj) दुवेस निर्मुंगी; पक्षपाताचो.

invigilate (v) (विद्यार्थी पेपर सोडयतात तांचेर) नदर दवरप.

invigorate (v) बळ दिवप; तेंको दिवप; उमेद, हुशारी दिवप.

invincible (adj) जाचेर जैत जोडूंक येना असो; अजिंक्य.

inviolable (adj) पवित्र; जाचेर आगळीक करूंक फावना, शक्य जायना असो.

invisible (adj) जो दोळ्यांक दिसना असो; दिश्टी पडना असो; अदृश्य रुपांत आशिल्लो.

invitation (n) आमंत्रण; आपोवणो; होंवळीक; • **invite** (v) आमंत्रण दिवप; होंवळीक सांगप; • **inviting** (adj) ओढ्लायणो; भुलयणो; सुंदर.

invocation (n) प्रार्थना; गाराणें; होरावणी; • **invoke** (v) गाराणें घालप; सांगणें करप; होरावप; प्रार्थना करप.

invoice (n) बील; आंकडो (म्हाल खरेदी केल्ल्याचो).

involuntary (adj) इत्सेविरयत; मनाआड केल्लो; आपाप्णे घडिल्लो.

involve (v) घुसपप; घुसपावप; सामील करप.

invulnerable (adj) अपाय करूंक येना असो; दुखोवंक येना असो.

inward (adj) भितल्लो; भितल्ले वटेनचो; • (n) आवक; • **inward register** (n) आयिल्ल्या पत्रांची नोंद करपाची पटी.

iodine (n) (घो) आयोडीन; एक वखद.

iota (n) कण; अणु; कूस; कुसकूट.

irate (adj) रागार जाल्लो; तापिल्लो; खुबळ्ळेलो; • **ire** (n) राग; तिडक; भिरभिरी.

iris (n) दोळ्याचे मंडोळेभोंवतणची आटी; □ इंद्रधनुश्य.

irksome (adj) उबगण हाडपी; नाका-पुरो करपी; कणकणावपी; वाजवाजायणो; वितरागाचो.

iron (n) लोखण; □ फेर; इस्त्री; □ घटसाण; कडकसाण; • (adj) लोखणी; बळिश्ट; • (v) कपड्यांचेर फेर मारप; इस्त्री करप; • **irons** (n) बेडयो; • **ironing board** (n) फेर मारपाखातीर तयार केल्लें कुशनाचें अशीर मेज; •

ironmonger (n) लोखणी सामान विकपी व्यापारी; • **ironmongery (n)** लोखणी सामानाचो व्यापार; • **ironsmith (n)** कामार; धवड.

irony (n) विपरीत; □ उरफाट्या अर्थाचें उलोवप; □ व्यंग; उपरोध; व्यंगोक्ती; • **irony of fate (n)** प्रारब्धाची विपरीत करणी; • **irony (adj)** लोखणाचो; लोखणासारको.

irradiate (v) कांती, सया, उजवाड फांकारप; चकचकप; □ (उपचार म्हणून) एक्स रे बी किरणां घालप.

irrational (adj) तर्काआड; □ तर्क चलनाशिल्लो; बुद्द नाशिल्लो; समजिकाय नाशिल्लो.

irrecognizable (adj) वळखूंक येना असो.

irreconcilable (adj) ताळ-मेळ घडना असो; समाधान करूंक नज असो; जाचेकडेन जुळना असो.

irrecoverable (adj) परतून मेळोवंक शकना असो.

irrecusable (adj) त्यागूंक नज असो; नाका म्हणूं नज असो; पत्करपाचो; स्वीकारपाचो; मानून घेवपाचो.

irrefutable (adj) न्हयकारूंक नज असो; जाप दिवंक कठीण असो (आरोप); खोडूंक येना असो (मुद्दो).

irregular (adj) नेमांक धरून न्हय असो; कायद्याआड; नेम पाळिनाशिल्लो; कशाकसोय; वांकडो-तिकडो.

irrelative (adj) अद्वातद्वा; जाचो कोणाकडेन, कित्याकडेन संबंद ना असो; असंबद्ध.

irrelevant (adj) मुद्द्याक सोडून आशिल्लो; विशयाक लागना असो.

irreligious (adj) अधर्मी; धर्मविरोधी.

irremediable (adj) उपाय ना असो; बरो जावचो ना असो; उपाय पारचोना अशी (पिडा).

irremissible (adj) भगसूंक फावना असो.

irreparable (adj) (लुसकान) भरून काडूंक नज अशें; सुधारूंक नज वा सरी करूंक नज अशी (वस्त).

irreplaceable (adj) जाचे सुवातेर दुसरो उपकरना असो; (शेणलो वा इबाडलो जाल्यार) दुसरो मेळूंक कठीण असो.

irrepressible (adj) आटापा येना असो; चड फुरफुरो; चिड्डूं नज असो.

irreproachable (adj) निर्दोश; निश्पाप; निश्कलंक.

irresistible (adj) हुकी हाडपी; तायणेंत घालपी; जाचो मोह चुकना असो.

irrespective of (adv) हिसपाक धरिनासतना; निरपेक्ष.

irresponsible (adj) बेजबाबदार; आपसुलाद; जापसालदारकी नाशिल्लो.

irreverent (adj) जाणट्यांचो आदर करिना असो; उर्मट.

irreversible (adj) (घेतिल्लो निर्णय) बदलूंक येना असो; मूळ स्थितीर हाडूंक येना असो; (इबाड) सासणाक जाला असो.

irrevocable (adj) फाटीं घेवंक येना अशी (थारावणी).

irrigate (v) कसपाचे भुंयेक उदकाची पुरवण करप; पाटांतल्यान उदक पावोवप; शिपप; • **irrigation (n)** शिपणें.

irritate (v) तिडावप; खुबळावप; राग हाडप; □ (कात) फुलप.

island (n) जुंवो; बेट; □ अलिप्त सुवात; • **street island (n)** गर्देच्या मार्गावयली चलतल्यांक मदीं रावंक सुवात; • **islander (n)** जुंव्यार रावपी; जुंवेकार; • **islet**

(n) लहान जुंवो.

isolate (v) एकसुरो दवरप; हेरांपासून कुशीक दवरप; • **isolation** (n) एकसूरपण; एकमुळेपण; कडसर.

• **issue** (n) विशय; मुद्दो; प्रस्न; □ निकाल; □ अंकाची प्रत; • (v) भायर सरप; भायर घालप; फळाक येवप; उजवाडावप.

isthmus (n) पाटो; उदकांतल्या दोन जमनी कुडक्यांक एकठावपी शीर.

italic (adj) (छापिल्लीं अक्षरां) उजवेवटेन पालगीं; तिरकस; • **italics** (n) छापिल्लीं पालगीं, तिरशीं अक्षरां.

itch (n) खरोज; चरतें; □ खातकुतली; खाज; किचम; □ खर उमळशीक; खर इत्सा; • (v) खोरजप; खाजप; □ उमळशीक लागप.

item (n) वस्त; □ वळेंतल्लो विशय; खबर.

itinerate (v) ठांय-ठांय भोंवप (उपदेश करंक; विचार मांडूंक).

ivory (n) हतयाचो सुळो; दांत; हस्तिदंत; • **ivory tower** (n) जंय जिवितांतले धकचपाटे नात अशी सुवात.

ivy (n) एक पाचवीचार वाल.

J j

J j रोमी अक्षरमाळेचें धावें अक्षर.

jab (v) (सूय बी) कुच्च करून तोंपप; रोमप; तोंकाचे वस्तून वा बोटान बी अचकीत धुकलप.

jabber (v) बडबडप; झांकप; समजूंक कठीण अशें कचकच करून उलोवप; • **(n)** बडबड; झांक.

jack (n) (घो) जॅक; जड वस्त पोंदच्यान उबारपाचें आवृत (मोटारीचो जॅक); □ इस्पिकेचो गुलाम.

jackal (n) कोलसुणो; कोलो; □ उणाक, हलकट व्यक्ती; उणाक कामांत सांगात दिवपी मनीस.

jackass (n) गाढव (नर); □ मूर्ख मनीस.

jackboot (n) धोंपरामेरेन पावपी बूट; □ सैनिकाची मस्ती.

jackdaw (n) एक कावळो.

jacket (n) (घो) जॅकेट; हातकापी ज्युदी, कोट; पुस्तकाचें वेश्टण.

jackfruit (n) पणस; पणसूल; • **raw jackfruit (n)** दाबण; कुंवलो.

jack-knife (n) व्हड कानवेत (दोडपाची सुरी).

jack-of-all-trades (n) जाका जायतीं तंत्रीक कामां कळटात असो (पूण अर्दकुटीं).

jackpot (n) एकादरो जिखमेरेन इस्पिकांच्या खेळांत वाडत वचपी दुडवांची रास.

jade (n) एक पाचवो खडो; □ खरशेल्लो, लागीं आयिल्लो घोडो; • **jaded (adj)** जाका पुरो जालां असो; खडपसूक.

jag (n) तळपाचें वा खडपाचें मुखार सरिल्लें तोंक; • **jagged (adj)** धारो, तोंकां आशिल्लीं (खडपां).

jaggery (n) गोड.

jaguar (n) (अमेरिकेंतलो) वागाच्या वर्गणांतलो एक प्राणी; बिबटो.

jail; gaol (n) (घो) जेल; कादय; बंदखण; • **jailer (n)** बंदखणीचो राखणदार; • **jailbird (n)** परपरत गुन्याव केल्ल्यान परपरत बंदखण भोगपी मनीस.

jam (n) हालवो; मुरांबो; □ खेट; गचमुड्डी; चिरंगट; • **(v)** चिड्डप; पिळप; □ यंत्र गच्च जावन बंद पडप; □ मार्गार गचमुड्डी जावप; येरादारीची चिरंगट जावप; □ रेडियो वा हेर ल्हारांच्या आवाजाक बादा येवप; बादा हाडप; • **jampacked (adj)** उपाट भरिल्लो; गच्च भरिल्लो.

jamb (n) दार वा जनेलाकुशींतलो खांबो.

jamboree (n) एक मोटो मेळ; □ भुरग्यांचो (बालवीर, वीरबालांचो) व्हड मेळावो; उत्सव; समारंभ.

jangle (v) घांट घणघणावप; घणघण आवाज करप.

janitor (n) दारार राखण करपी; द्वारपाळ; मुकदम; • **janitress** (n) दारार राखण करपी; देखरेख करपी बायलमनीस.

January (n) जानेवारी; क्रिस्ती वर्सांचो पयलो म्हयनो.

jar (n) (घो) ज्यार; आच्यांव; बुयांव; • (v) कर्कर्र आवाज काडप, येवप; करकरप; कर्कश आवाज कानार पडप; • **jarring** (adj) कर्कश.

jargon (n) कांय पंगडांची खाशेली भास वा उतरावळ जी दुसऱ्याक समजना; दुसऱ्याक समजना असलें उलोवप.

jasmine (n) जाय वा जुयेसारकें वासाच्या फुलांचें झोप, फूल.

jasper (n) सूर्यकांत मणी.

jaundice (n) कामीण; काकोय.

jaunt (n) मौजेची पासय; फेरी.

jaunty (adj) उमेदी; प्रसन्न.

javelin (n) खेळांतलो भालो.

jaw (n) दाडवण.

jay (n) एक शेवणें निळ्या गळ्याचें (येवरेपांतलें); □ वाचाविदळ; • **jaywalker** (n) मार्गार येतादारीचें भान धरिनासतना भोंवपी; • **jaywalking** (n) मार्गार कशेंय चलप.

jazz (n) अमेरिकन निग्रोंचो एक संगीत प्रकार; • (v) बडवाचाराचें उलोवप वा वागप; □ उतेजीत करप; रसरसावप.

jealous (adj) दुस्वाशी; मत्सरी; कुण्णाटी; मनांतल्यान दुसऱ्याचेर जळपी.

jeans (n) निळ्या जड्डया कपड्याचीं कलसांवां.

jeep (n) (घो) जीप; मोटारीचो एक प्रकार.

jeer (v) हुशयो घालप; किळांची मारून लज करप; □ थोमणे मारप; • (n) हुशयो; हुर्यो.

jell (v) (एकादरो खावपाचो जिनस करतना) तयार जायत येवप.

jelly (n) (घो) जॅली; फळांचो हालवो; मुरांबो.

jemmy (n) लहान पारय जिका एका तोंकार बाग आसता; कटावणी.

jeopardize (v) संकश्टांत, अडचणींत घालप; • **jeopardy** (n) संकश्ट; अडचण; धोको.

jerk (n) गचको; धसको; हिसको; हिसडो; • (v) गचको दिवप; कच्च करून हालोवप.

jerkin (n) (घो) जरकीन; आंगाक चप्प बसपी चामड्याची ज्युदी.

jerry built (adj) कशायकसो बांदून काडिल्लो; उणाक जिनस घालून तारकतिकेन घडिल्लो.

jersey (n) (घो) जर्सी; स्वेटर; □ जर्सी जातीची दुदाची गाय (जर्सी : गांव-नांव).

jest (n) मौजा; फकाणां; भगलो; विनोद; • (v) कितेंय सांगून वा करून हेरांक हांसोवप; नकलो करप; खेबडायो करप; • **jester** (n) दरबारांतलो विदुशक; फकाणां, नकलो करपी (वेवसाय कसो).

jet (n) शिळकी; उसळपी धार; पिचकारी; शिवर; फवारो; □ एक विमान प्रकार; □ वस्तींत वापरपाचो एक काळो खडो; • (v) धार सोडप; फवारो मारप; • **jet black** (adj) काळे किट्ट; • **jet lag** (n) विमानाच्या दीर्घ प्रवासा उपरांतचें पुरो जावप (वेळाचे जुळोवणेक लागून).

jetsam (n) (वजन उणें करूंक) तुफानावेळार बी बोटींतल्यान दर्यांत उडयल्लो म्हाल; तडीक लागिल्लो म्हाल.

jettison (v) (बोट वा विमानांतल्यान) संकश्ट काळांत म्हाल भायर उडोवप.

jetty (n) (घो) जॅटी; ल्हान धको; घाट.

jewel (n) रत्न; जवाहर; • **jewelry, jewellery (n)** दागिने; जडावाच्यो वस्ती; • **jeweller (n)** वस्ती, दागिने करपी, विकपी बी; शेट; सोनार; सुवर्णकार; जवेरी.

jib (n) तारवावयलें तिरकोणी शीड; □ यारीचो (क्रेनीचो) फुडें आयिल्लो हात; • **(v)** (घोडो) अकस्मात थारप; भुजप.

jibe, gibe (v) भगलो मारप; फकाणां करप; तावल्यो-बावल्यो करून दुसऱ्याक दुखोवप; खेबडायो करप.

jiffy (n) खीण; पळ; सामको थोडो वेळ.

jig (n) उडक्यांचो एक नाच; □ मौजमजा; • **(v)** खोशयेन नाचप; उडक्यो मारप.

jiggle (v) झेलप; सवकास झेलोवप; वयर-सकयल जावप; हालप.

jigsaw (n) ठवयाचें एक आवत; खरवतीचें पातें; • **jigsaw puzzle (n)** भुरग्यांखातीर कुवाड्याचो खेळ (चित्राचे कुडके एकठावन नव्यान चित्र करप).

jilt (v) मोगाचो खेळ करून मागीर अचकीत संबंद तोडप.

jingle (v) किणकिणप; छनछनप; • **(n)** नाणीं, चावयो आदींचो नाजूक किणकिण आवाज; • **jingling bell (n)** झंजर; किणकिण आवाज करपी घंटी.

jingo (n) कट्टर राष्ट्रवादी.

jitter (v) कांचवेवप; कांच घेवप; गोंदळप; भियेवप; • **(n)** भयाभीत आवतिकाय.

jive (n) एक संगीत प्रकार; ह्या संगिताचेर आधारलेलो नाच.

job (n) (कसलोय) वावर; केल्लें काम; नोकरी; • **(v)** फुटकळ काम करप; • **job-work (n)** फेती; कारागिरी; • **jobbery (n)** भ्रश्टाचार; सत्तेचो वायट उपेग.

jockey (n) रेसीचो घोडो चलोवपी.

jocose, jocular (adj) विनोदी; फकाणेर.

jocund (adj) धादोशी; खुशाल; प्रसन्न.

jog (v) (लक्ष ओडूंक, पाचारूंक) मातसो धुकलप; हालोवप; गचकावप; □ व्यायाम जावचो म्हणून सवकास धांवप.

join (v) जोडप; सांदोवप; सांगात दिवप; वांटेकार जावप; वांगडा रावप; एक करप; वांगडी जावप; रूजू जावप; □ रस्तो रस्त्याक मेळप; • **(n)** दोन वस्तू जोडटात, सांदयतात ती सुवात.

joiner (n) इमारतींक दारां, जनेलां, लाकडी सपणां बी करपी ठवय.

joint (n) वस्तू सांदयतात ती सुवात; सांदो; गांठ; पेर; तिटो; चवाटो; • **(adj)** सांगाती; सह; सांगाताचो; वांगडचो.

jointure (n) विधवेची येणावळ; विधवा-धन.

joist (n) पाटी; वांसो.

joke (n) (घो) ज्योक; विनोद; फकाण; हांसयाळें; हांसोवपाक सांगिल्ली गजाल; • **(v)** हांसोवप; विनोद करप; फकाणां मारप; ज्योक सांगप.

jolly (adj) खुशालभरीत; धादोशी; प्रसन्न; आनंदीत.

jolt (v) धक्को, गचको दिवप; कच्च करून हालोवप; • **(n)** गचको; धक्को.

jostle (v) धुकलप; आंगार पडप; बखांदी मारप; • **(n)** बखांदी; धक्को.

jot (n) कण; कुसकूट; • **(v)** थोडे भितर बरोवन (टिपून) घेवप; • **jotter (n)** ल्हान पटी; टांचण-चोपडी.

journal (n) नेमाळें; खबरांपत्र; □ दिसपट्टी नोंदवही; • **journalism (n)** पत्रकारिता; पत्रवेवसाय; • **journalist (n)** पत्रकार.

journey (n) प्रवास; भोंवडी; यात्रा; • (v) यात्रेक, भोंवडेक वचप.

joust (n) दोगां सरदारां भितल्ली घोड्याचेर बसून भाल्यांची लडाय; लटाफट.

jovial (adj) खुशाल; प्रसन्न; दिलखुलास; आनंदी; हांसत्या मुखाचो.

jowl (n) खाडकी; गळ्याकडली सुटिल्ली कात.

joy (n) धादोसकाय; खुशालकाय; आनंद; खोस; उमेद; भुरकुटो.

jubilant (adj) (जैतान) खोशी जाल्लो; उमेदी.

jubilee (n) सुवाळो; उत्सव (रुप्या उत्सव, भांगरा उत्सव वी); समारंभ, जयंती.

Judas (n) जेजूचो जूदम शिश्य; • **judas** (n) विस्वासघातकी; घातमारो; भेदी.

judge (n) न्यायाधीश; मनसुबदार; नितीदार; जुवीज; □ पारखी; तजुंगी; • (v) न्याय निवाडो दिवप, करप; □ विचार करप; समजप; अदमासप; • **judgement** (n) न्यायाधिशान दिल्लो निकाल; नीत; निवाडो; निर्णय; □ मनसुबी (देवान केल्ली); □ मत; अदमास; पारख.

judicable (adj) नीत जावंक जाय अशो; मनसुबी करपामाग्को; • **judicature** (n) देसांतली न्यायसभा; न्यायवेवस्था; न्यायाधिशाची कचेरी; न्यायाधिशाचो पगड; खंडपीठ.

judicial (adj) न्यायासंबंदीत; नीत करपाचो; □ पक्षपातविरयत; • **judiciary** (n) राज्याची पुराय न्यायालयीन मांडावळ; न्यायसंस्था; • **judicious** (adj) समजिकायेचो; बुदवतकायेचो; नितीक धरून आशिल्लो.

judo (n) (घो) ज्युडो; जपानी खुस्तीप्रकार.

jug (n) (घो) जग; उदकाचें एक आयदन जाका चोंच आनी कान आसता.

juggle (v) हातचलाखी करप (एकाच वेळार कितलेशेंच पेल्ल वयर उडोवप तशें जिखप); धुसपावन फटोवप.

jugular (adj) मान आनी ताळ्यासंबंदीत.

juice (n) फळाचो वा पाल्याचो रोस.

ju-jitsu, ju-jutsu (n) जपानी खुस्तीप्रकार.

jujube (n) बोर (झाड तशें फळ).

juke-box (n) नाणें घालतकूच जाय तें पद गावपी ग्रमोफोन.

July (n) जुलय; क्रिस्ती वर्साचो सातवो म्हयनो.

jumble (n) घोटाळो; धुसपागोंदळ; कशायकशी केल्ली भरस; कचकच.

jumbo (adj) हतयाभाशेन मोटें (कितेंय : मनीस, जनावर, वाहन, वस्त वी); • (n) हती.

jump (n) उडकी; उडी; लाग; □ (दशंत) अचकीत वाड; • (v) उडकी, उडी, लाग मारप.

jumper (n) स्वेटर; जंपर.

jumpy (adj) कांचवेल्लो; गोंदळ्ळेलो; रोखडोच उचांबळ जावपी.

junction (n) (घो) जंक्शन; रेल्वेचें जंक्शन; न्हंयांचो संगम; सांदो; तिस्क; चौक; घांव.

juncture(n) संदीकाळ; म्हत्वाचो वा नाजूक वेळ; • **at this juncture** ह्या खिणाक; ह्या वेळार.

June (n) जून; क्रिस्ती वर्साचो सवो म्हयनो.

jungle (n) (घो) रान; जंगल.

junior (adj) पिरायेन, हुद्द्यान, पांवड्यान धाकलो; फाटलो (भाव); कनिश्ट (विभाग).

junk (n) कोयर; कचप; कावल; घरांतल्यो वा कारखान्यांतल्यो उपेग नाशिल्ल्यो वस्तू.

junket (n) दुदाची मिठाय; गोडशें; जेवणाची कार्यावळ.

junkie (n) घुंवळे वखदांची वीद लागिल्लो; माण्याची वीद लागिल्लो; माणेंकार.

junta (n) पंगड; संस्था; □ क्रांती उपरांत हातांत सत्ता घेवपी पंगड.

jupe (n) लेंगो; घागरो.

Jupiter (n) (घो) ज्युपिटर; गुरू; बृहस्पती गिरो.

jural (adj) कायद्यासंबंदीत; लागणुकेसंबंदीत आनी नितीसंबंदीत.

juridical (adj) न्यायासंबंदीत; • **jurisdiction (n)** कायद्याची सत्ता चलता तो प्रदेश; न्यायकक्षा; • **jurisprudence (n)** न्यायशास्त्र; • **jurist (n)** कायद्याचो जाणकार; कायदोतज्ञ; • **juror (n)** ज्युरीचो सभासद; पंच न्यायाधीश; • **jury (n)** (घो) ज्युरी; निवाडो दिवपी न्यायाधिशांचो पंगड.

just (adj) न्यायाचो; □ फावोसो; योग्य; □ प्रामाणिक; □ कायद्याचो; वैध; □ बरोबर, सारको; • **(adv)** आतांच; हालींच; फकत; त्याच खिणाक; तेन्नाच.

justice (n) निवाडो; नीत; न्याय; मनसुबी; □ झडटी; रुजवात; □ न्यायाधीश; नितीदार; मनसुबदार; जुवीज.

justify (v) न्यायाक धरून आसा म्हणून सिद्ध करप; पटोवप; जुळोवप; □ पासप; □ कारण दिवप.

jut (v) भायर येवप; सरप; मुखार येवप.

jute (n) (घो) ज्यूट; सण; ताग.

juvenescence (n) जुवानपण; तरणाटेपण; तरुणाई.

juvenile (adj & n) नवजात; नवयुवक; किशोर; • **juvenile delinquency (n)** बाल-अपराध; बाल-गुन्यावगारी; • **juvenile literature (n)** बाल-साहित्य; किशोर साहित्य.

juxtapose (v) म्हज्यांत दवरप; रावप; एकामेकांक तेंकून दवरप; • **juxtaposition (n)** सन्निधी.

K k

K k रोमी अक्षरमाळेचें इकरावें अक्षर.

kaleidoscope (n) (घो) कॅलिडोस्कोप; चित्रविचित्र रंगारंगांच्यो आकृतायो दाखोवपी हाग्गाकुडके आशिल्ली नळी; □ चित्रविचित्रक; □ बदलत वचपी देखाव.

kangaroo (n) (घो) कांगारू.

kaolin (n) चिकापिरयो करपाची चिनी माती.

kapok (n) कापसासारको एक पदार्थ (हाचेर उदकाचो परिणाम जायना).

karate (n) (घो) कराटे; मुठी आनी खोटानी मारामारी करपाचो प्रकार (मूळ जपानी).

kayak (n) एस्किमो लोकांचो एक पनेळ.

kebab (n) (घो) कबाब; खावपाचो एक जिनस (मांसाचे तळिल्ले दांगर).

kedge (n) लहान नांगर (होड्याचो).

keel (n) तारवापोंदची लांबलेलाब पट्टी; तारवाचो कणो; • **(v)** तारूं उमथप; पोंदचो भाग वयर जावप; □ घुंवळ येवन अचकीत पडप.

keen (adj) धारेचो; तीक्ष्ण; □ बुदवंत; बारीकसाणेचो; दूरदर्शी; □ उमेदी; उमळशिकेचो.

keep (v) (वस्त) दवरप; सांबाळप; सांबाळून दवरप; (गुपीत) राखप; (तकली शांत) दवरप; (कळयत) रावप; (चलत) रावप; जतनाय काडप; तगप; तिश्टायत दवरप; (उतर) पाळप; (सुवाळो, सण-परब) मनोंवप; • **(n)** जेवणखाण; (कुडीची) पोंसवण; • **keeper (n)** कारभारी; पालक; राखणदार; राखणो; • **keepsake (n)** मोगावें यादस्तीक; उगडासापासत दिल्ली वा घेतिल्ली वस्त.

keg (n) पीप; लहान बल्ल (अदमास १० गॅलनांचें).

ken (n) गिन्यानाचो वा नदरेचो आवाठ; • **(v)** समजप; जाणप; • **beyond one's ken:** समजापेलो.

kennel (n) सुण्यापासत केल्ली लहान रावतिका; सुर्णी सांबाळपाची खाशेली सुवात; □ गटार, मोरी.

kerb (n) पासयेची, फुटपायरेची बांदून काडिल्ली कड.

kerchief (n) बायलांचो माथ्याचो लेंस; रुमाल.

kernel (n) म्होवलो; गर; गरोप; खोबरें; □ सार; □ कसलेय गजालीचो म्हत्वाचो भाग.

kerosene (n) (घो) केरोसीन; पेट्रोल; फातरेल; घासलेट.

ketch (n) दोन धोलकाठयांचें वा कुंव्याचें होडें.

ketchup (n) (घो) कॅचप; तोमातांचें, अळम्यांचें बी दाट आंबट-तीख.

kettle (n) (घो) कॅटल; बूल.

key (n) चावी; □ गिन्यानाची चावी; जाप; • **(adj)** चड म्हत्वाचो; • **keyhole (n)** दाराचो वा कुलपाचो चावी घालपाचो बुराक; • **keynote (n)** व्याख्यानाचो मुखेल मुद्दो; □ (गावपाचो) मुखेल सूर; • **keystone (n)** मूळ तत्व; □ आधाराची वस्त.

kibe (n) शिंयान पडिल्लो कातरो.

kick (v) खोंट मारप; फांपार मारप; लाथ मारप; □ मोटारसायकलीक, स्कुटरीक बी पांय (कीक्) मारप; पांयान धुकलप; • **(n)** (घो) कीक; खोंट; फांपार; खोंटीचो धपको; □ माणें; कैफ; नशा; कींव.

kid (n) भुरगें; किशोर (पिरायेन); □ बोकडे-पील; • बोकडे-पिलाचें चामडें; • **(v)** तिडावप; फटोवप (जातूंत लुसकान ना असलें); कोलावप.

kidnap (v) अपहरण करप; मनशाक जबरदस्तेन उबारून व्हरप आनी सुटकेपासत पयशे बी मागप.

kidney (n) (घो) किडनी; मुत्रपिंड.

kill (v) जिवानशीं मारप; खून करप; जीव काडप.

kiln (n) आगटें; खोर्न; भट्टी (विटांची बी).

kilogram (n) (घो) किलो; 1000 ग्राम वजन; • **kilometre, kilometer (n)** (घो) किलोमीटर; 1000 मीटर लांबाय; • **kilowatt (n)** 1000 वॉट् वीज पुरवण.

kimono (n) जपानी चोगो.

kin (n) संबंदीत; नातेवर्गी.

kind (n) वर्ग; जात; तरा; प्रकार; • **(adj)** बरो; भलो; मोगाळ; दयेस्त; • **kindness (n)** कृपा; दयाळपण; दया.

kindergarten (n) बालमंदिर; बालवाडी; भुरग्यांचें आंगण; (घो) किंडरगार्टन; केजी.

kindle (v) पेटप; पेटोवप; वात लावप; जागोवप; उमेद हाडप, जावप.

kindred (n) नातेवर्गी; सोयरे-दायरे.

kine (n) गायो; गोरवां.

kinetic (adj) वेगासंबंदीत; गतीविशींचो.

king (n) राजा; राय; नरेश; □ (बुद्धीबळांतलो, इस्पिकेचो) राजा; • **kingdom (n)** राजाचें राज्य; राजाची राजवटकी चलता तो प्रदेस; □ खनीज, वनस्पत वा प्राणी संवसार; • **kingship (n)** राजापण; राजवट.

king cobra (n) नागराज.

kingfisher (n) किरकिरो; निळ्या पांखांचें शेवणें.

kingpin (n) म्हत्वाची व्यक्ती; □ यंत्राची म्हत्वाची पाचर (बोल्ट).

kink (n) सरपळेक वा दोराक पडिल्लो पीळ; गांठ.

kinship (n) नातें; संबंद; भावकी; □ सारकेपण; सारकाय.

kiosk (n) मार्गाकुशीक गरजेच्यो वस्तू विकपी गाडो; टेलिफोन बूथ.

kipper (n) खरें (नुसतें).

kiss (n) (घो) कीस; उमाव; उमो; चुंबन; (भुरग्याक) पापी; • **(v)** उमाव घेवप; चुमप; □ पापी घेवप.

kit (n) हडप; आवतांची ल्हान पेट वा पोती.

kitchen (n) रांदचीकूड.

kite (n) पतंग; सरंगो; □ घोण.

kith (and kin) इश्ट; नातेवर्गी, संबंदीत, सोयरे बी.

kitten (n) माजराचें पील; • **kittenish (adj)** माजरा पिलाभाशेन खेळपी (वृत्ती).

kitty (n) आपसांत पुंजायल्ले दुडू.

kiwi (n) एक पक्षी (न्यूझिलंडचो, जाका उडूंक येना); □ न्यूझिलंडांतले लोक.

kleptomania (n) (गरज नासतना) चोरपाचें पिशें; सुतलावपाची वींद.

knack (n) कळाशी; खुबी.

knag (n) लाकडाचें गूंज; खुटी.

knapsack (n) फाटीर हुमकळावची गरजेच्या वस्तूंची पोती.

knave (n) ठक; नाड; फर्टींग; □ इस्पिकेचो गुलाम.

knead (v) हातांनी पीठ कालोवन मळप; □ मालीश करप.

knee (n) धोंपर; दिमी; • **(v)** दिमी मोडप; दिमी मारप; • **kneecap (n)** धोंपराची वाटी.

kneel (v) दिमी मारप; दिमयेन बसप.

knell (n) मरणाची घांट; मरण जालां वा अन्ययात्रा आमा म्हण कळोवणेपासत वाजयतात ती घांट (घणघण); • **(v)** मरणाची घांट वाजोवप.

knickers (n) चड्डी.

knife (n) चाकू; सुरो; सुरी; पिसकाती; • **closable knife (n)** कानवेत.

knight (n) सरदार; आदल्या काळांतलो (घोड्यावयलो) झुजारी; इंग्लडातलो एक सन्मान; • बुद्धिबळांतलो घोडो.

knit (v) (कपडो) विणप; विणकाम करप; जोडप; मेटप; □ कपलाक आटयो, मिरयो घालप; • **knitwear (n)** विणिल्ली आंगावलीं, वस्त्रां.

knob (n) गवेताची वा दाराची मूठ; थोरू; मुंडो; □ गूंज.

knock (v) (दारार) मारप; दार खटखटावप; □ धपको दिवन सकयल उडोवप; आपटप; • **(n)** धपको; आवाज; खटखट; बखांदी.

knoll (n) दोंगुल्ली.

knot (n) गांठ; गूंज; शेंडो; आंबाडो; खोपो; □ बोटीचे गतीचें माप; • **(v)** गांठ मारप; किरवंट खोवप; • **knotty (adj)** गूंजांचें; गांठींचें; गूंजट; □ घुमपागोंदळाचें; गटखळ; कठीण; किचकनडीचें.

know (v) जाणप; जाणा जावप; वळखप; खात्री करप; • **knowable (adj)** जाणकार; गिन्यानी; • **know-all (n)** सर्वज्ञाणो; • **knowingly (adv)** जाणा जावन; खबर आसतना; वळया; मुजरत; • **knowledge (n)** ज्ञान; गिन्यान; विद्या; म्हायती; खबर; वळख; • **knowledgeable (adj)** जाणकार; सुविद्य; शाणोमुर्तो; • **known (adj)** वळखीचो; नामनेचो; चारचौग जाका वळखतात असो; □ जाका जाण (म्हायती) आसा असो.

knuckle (n) बोटाचें पेर; बोटाच्या सांद्याचें हाड.

knurl (n) (लाकडाचें) गूंज.

kohl (n) सुरमो; काजळ.

kokam fruit (n) भिण्ण; • **kokam juice (n)** भिण्णाचें अगळ.

koleroga (n) फळां गळपाचो रोग (बेंडे बी).

L l

L l रोमी अक्षरमाळेचें बारावें अक्षर.

laager (n) लस्करी गाडयांचो तळ.

label (n) (घो) लेबल; (खंयचेय वस्तूक लायिल्ली) खुणे-चीट, कुरवे-चीट, वळख-चीट, दर-चीट बी; • **(v)** लेबल लावप.

labial (adj) ओंठांचो; ओंठांसंबंदीत; ओंठयो.

laboratory (n) शास्त्रीय प्रयोगशाळा.

labour (n) वावर; कश्ट; श्रम; प्रयत्न; □ कामगार; मानाय; □ बायंटीच्यो वेणो; • **(v)** दुसऱ्यापासत कश्टप; वावरप; • **labourer (n)** कामगार; मानाय; वावराडी; आंगमेनतीचें काम करपी; श्रमजिवी; • **laborious (adj)** चड कश्टांचो; चड मेनत करपी.

labyrinth (n) चक्रव्यूह; घुसपणेचो मार्ग; वांकडो तिकडो मार्ग; □ कठीण प्रस्न; □ कानाभितल्लो बुराक (सरळ न्हय असो).

lac (n) (एक संख्या) एक लाख; शंबर हजार; □ लाख (लेप).

lace (n) (घो) लेस; □ बुटांचें फीत; □ विणिल्लें रेंद; • **(v)** फीत बांदप.

lacerate (v) (कात, मांस बी) चर्र करून कातरप; चिरप; फाळप; घाय करप; □ लागसारकें उलोवन दुखोवप; केणप; दुख्ख दिवप.

lachrymal (adj) दुकांचो; दुकांसंबंदीत; दुकांपासत; • **lachrymose (adj)**दुकांनी भरिल्लो; दुकां हाडपी (बाम); दुकां गळोवपी; □ रोखडोच रडपी.

lack (v) तूट आसप; उणाव आसप; नुपुरवण येवप; • **(n)** तूट; उणाव; गरज; अभाव; नुपुरवण.

lackadaisical (adj) उमेद नाशिल्लो; मेंगो; सुस्त; □ सभावान गळगळो.

lackey (n) चाकर; □ पाळवो; शेरको; □ लेंगलेंग करपी; चमचो.

lacklustre (adj) दुबळो; निस्तेज; फिकट; धवपाण पडिल्लो.

laconic (adj) थोड्याच उतरांनी सांगपी; थोडेंच उलोवपी.

lacquer (n) लाखेचो लेप, थर; □ केंस चप्प बसपाचें एक तेल; • **(v)** लाख लावप; □ केंसांक तेल लावप; • **lacker work (n)** लाखकाम.

lactic (adj) दुदाचो; • **lactic acid (n)** विरजण; • **lactometer (n)** दुदाची दाटसाण मेजपाचें उपकरण.

lacuna (n) पोकळसाण; उणेपण; उणाव; अभाव; दोश.

lad (n) भुरगो (किशोर पिरायेचो; तेरा

ते एकुणीस वर्सांचो).

ladder (n) निसण; शिडी; देळे.

lade (v) (बोटीर बी) म्हाल भरप; • **laden (adj)** (म्हाल बोटीर) उप्पट भरिल्लो; चडोवन जाल्लो; • **lading (n)** बोटीर चडयल्लो म्हाल.

ladle (n) पळी; दावल; कांसो; दोय.

lady (n) बायल मनीस; महिला.

ladybird (n) एक काळ्या थिबक्यांचो तांबसो हळडुवसार जीव.

lady's finger (n) भेंडो.

lag (v) सवकास चलप; सवकास चलिल्ल्यान फाटीं उरप, पडप; • **(n)** कामाक जाल्लो कळाव; फाटीं उरिल्ल्यान पडिल्लें अंतर.

lager (n) बियरीचो एक प्रकार.

laggard (adj) मेगो; आळशी; सुस्त; फाटल्यान उरपी.

lagoon (n) न्हंयचे देगेकडलो शेत जमीन; खाजन.

lair (n) सावदांची धोल वा विसवाची सुवात.

laissez-faire (n) जाय तसो व्यापार धंदो करूक सरकारान दिल्ली मेकळीक; अनिर्बंद व्यापार-धंद्याचें स्वातंत्र्य.

laity (n) (इगर्जेचो पुरयत वर्ग सोडून) हेर सामान्य लोक; (इगर्जेकडेन संबंदीत) रामवळ लोक; त्या-त्या वेवसायांतल्या मनशाक तागेल्या वेवसायाभायलो लोक.

lake (n) तळें; • **dry lake (n)** सुकतळें; सुकाळें.

lamb (n) बोकडे-पील; बोकडे-पिलाचें मांस; □ सादो-भोळो मनीस; □ कवळें भुरगें.

lambaste, lambast (v) चाबकान फोडप; □ तापोवन, उजरावन काडप.

lame (adj) धोंटो; पांगळो; अपंगूळ; अचकूल; कुटून चलपी; □ (कारण) पटना अशें; पोकें; (खुलासो) समाधान करिना असो; • **(v)** पांगळो करप.

lament (v) दुखव करप; दुखव परगटावप; चुरचुरप; विकळापप; • **(n)** चुरचुरे; विकळाप; • **lamentable (adj)** चुरचुऱ्यांचो; काकूटवाणो; दुखदिणो.

lamina (n) पातें; पातळ थर; पत्रो; • **laminate (v)** धातू धाडावन ताचे पातळ पत्रे करप; पातळ पानां करप; पातळ पानांचें वेश्टण दसोवप; प्लास्टीक वेश्टण दसोवप; फोली एकार एक दसोवप.

lamp (n) दिवो; दीप; • **crude lamp (n)** कवदो; चूड; • **row of lamps (n)** सरमाळ; • **tree of lamps (n)** दिवली; • **waving of lamp before somebody (n)** आरत करप; • **lamp black (n)** दिव्याची काजळी; घस; • **lamp-post (n)** मार्गावयलो दिव्या-खांबो.

lampoon (n) निंदा नालस्ती केल्लें बरप; • **(v)** बरपांतल्यान नालस्ती करप.

lance (n) भालो; • **(v)** भालो मोखप; □ वैजान आपणाले सुरयेन चिरप; फाळप.

lancet (n) वैजाची सुरी; लहान सुरी.

land (n) धर्ती; भूंय; जमीन; थळ; □ माती; □ गांव; देस; □ भाट-बेंस; • **(v)** (विमान बी) देंवोवप; उतरावप; □ (बोट) धक्याक लावप; धक्यार देंवप; • **distant land (imaginary) (n)** कोकस्तान; • **landlady (n)** भाटकान्न; भाड्याक दिल्ल्या घराची धनीण; • **landlord (n)** भाटकार; धनी; भाड्याक दिल्ल्या घराचो धनी; • **landlocked (adj)** भुंयेन रेवडायल्लो; भोंवतणी जमीन आशिल्लो (देश); • **landmark (n)** शिमे-फातर; नीस; □ दर्यांत भोंवतल्यांक

भूंय दाखोवपी कुरू; □ म्हत्वाची घडणूक; • **landscape (n)** नदरेच्या आवाठांतलो देखाव; सैमाचें चित्र; • **landslide (n)** कोसळ्ळेलें देगण; • **landslide victory (n)** व्हड प्रमाणांत जैत.

lane (n) पायण; हाळ.

language (n) भास; बोली; उलयतात-बरयतात तीं उतरां; □ एकादच्या पंगडाची बोली.

languid (adj) जीवसाण वा त्राण नाशिल्लो.

languish (v) अशक्त जावप; आंग सोडप; भागत वचप; खिन्नटप; खचप.

languor (n) सुस्ती; त्राण नाशिल्ली स्थिती.

lanky (adj) किरपीण; लांब किडकिडीत (मनीस).

lanolin(e) (n) कातीचेर लावपाचें एक वखद.

lantern (n) लाटण; लांपयांव.

lanyard, laniard (n) (खांदाची) पिल्तुकेची दोरी; □ बोटीचो दोर.

lap (v) जिबलेन चाटप; □ गुठलावप; वेश्टप; • **(n)** चाटपाचो आवाज; □ मांडी; □ भोंवाडो.

lapse (v) मुजतींत करूंक नाशिल्ल्यान बातील जावप; मुजत सोंपप; नूल जावप; • **(n)** ल्हानशी चूक; घळयेपण; विसराय.

larcener (n) चोर; • **larceny (n)** (किरकोळ वस्तू) सुतलावणी.

larch (n) देवदार रूख.

larder (n) जिनस दवरपाची आरमार वा कत्रेल.

large (adj) आवाठान वा संख्येन व्हड; लांब-रूंद; मोटो; विशाळ; • **large-hearted (adj)** व्हड काळजाचो (मनीस); मनान उदार.

largess(e) (n) उदार मनान, सदळ हातान दिल्लें दान वा देणगी.

lariat (n) दोरी (घोड्याक चरूंक सोडटना बांदपाची); दावें (गोरवांक खुट्याक बांदपाचें).

lark (n) एक गावपी शेवणें; □ मौजा; फकाणां.

larva (n) तांतयांतल्यान निकतीच भायर सरिल्ली कीड.

laryngitis (n) ताळ्याची सूज.

larynx (n) कंठ; ताळ्यांतल्यो आवाजाच्यो शिरो.

laser (n) (घो) लेसर; उजवाडाचीं किरणां निर्मून तीं एकठावन खर करपाचें यंत्र.

lash (n) चाबकाची वादी; चाबूक (फटको; झटको); • **(v)** शेंपडी नेटान हालोवप वा शेंपडी मारप; चाबूक मारप; चाबकाचे फटके मारप; लाथ झाडप; झोडप; (पावसाचे थेंबे) तडतड करून पडप; गच्च बांदप; □ दुसऱ्याची खर नालस्ती करप; (उतरांनी) झोडून काडप.

lass (n) चलीभुरगें; चली; तरुणी; • **lassie (n)** ल्हान चली.

lassitude (n) आळसाय; उबगण; काम करप नाकाशें दिसप; थकणी.

lasso (n) पारपोळ गोरवांक, घोड्यांक बी धरपाची कोयणेची दोरी; □ सावदांक धरपाची दोरी.

last (n) मोची बूट करतना उपकरायतात ती लांकडी वा धातूची मूस; □ निमाणी, फाटली चीट; निमाणी व्यक्ती वा वस्त; • **(adj)** सगल्यां उपरांत येवपी, जावपी; निमाणो; फाटलो; गेल्लो; • **(adv)** निमाणें; शेवटाक; अखेरेक; गेल्ले फावटी; • **(v)** चालू उरप; वापरांत उरप; तगप; पावप; • **lasting (adj)** सासणाचो, तगपाचो; घट.

latch (n) दाराची, दवरट्याची खिळी; □ दार ओढून घेतले बराबर आपशींच लागपी कलयाद.

late (adj) कळाव जाल्लो; उसरां पाविल्लो; निमाणो; आतांचे आदलो; मागूस; □ अंतरलेलो (हालींच भायर पडिल्लो ह्या अर्थान); • **(adv)** कळावान; कांय काळा उपरांत; उपरांत; उसरां; निमाणें; • **latest (adj)** सामको निमाणो; हालींसरावो; नवोताल्त.

latent (adj) (गूण) सुप्त; लिपून आशिल्लो; आंगांतलो; परगटूक नाशिल्लो.

lateral (adj) कुशींतलो; कुशींचो; कडेचो; बगलेचो; आडवो; आड; • **lateral branch of family (n)** भावाची वा भयणीची संतत.

latex (n) झाडाचो घवो दीख.

lath (n) लाकडाची लांब आनी पातळ कांब.

lathe (n) (घो) लेथ; लाकूड वा धातू कातरपाचें, कोरांतपाचे यंत्र; (कुमारांचें) चक्र.

lather (n) (शाब्बाचो बी) फेण; • **(v)** फेण येवप; □ खाड करतना पोल्यांक फेण लावप; □ घोड्याक वाबकांनी झोडप; मनशाक खूब मारप, बडोवप.

Latin (n) (घो) लॅटीन; रोमाची पुर्विल्ली तशी मदल्या काळांतली भास; • **(adj)** रोमन जातीचो; रोमन कॅथलीक संप्रदायाचो; • **Latin America (n)** लॅटीन पासून तयार जाल्ल्यो भाशा उलोवपी लोकांची वसती आशिल्ले दक्षिण अमेरिकेतले प्रदेश.

latitude (n) अक्षांश; □ मेकळीक; सूट; □ विस्तार; आवाठ.

latrine (n) (भौशीक सुवातेवयलो) संडास, मुत्री बी.

lattice (n) जाळी (वाल वाडून पसरची म्हणून वापरचेली).

laud (v) तोखेवप; तुस्त करप; • **laudable (adj)** तोखेवपासारको; तुस्त करपासारको.

laugh (n) हांसो; • **(v)** हांसप; • **laughable (adj)** हांसपासारको; • **laughter (n)** हांसो; हांसपाचो आवाज; • **laughing stock (n)** हांसपाचो, बकच्छायांचो विशय.

launch (n) (घो) लाँच; वाफोर, फेरीबोट बी; उदकांतल्यान लहान फेरयो मारपी यंत्र-बोट; • **(v)** दर्यांत सोडप; □ नव्या कार्यक्रमाचो आरंभ करप; सुरू करप.

launder (v) मुस्तायकी उमळप आनी फेर मारप; • **laundry (n)** (घो) लाँड्री; मुस्तायकी धुवंक दिवपाचें ठिकाण.

laureate (adj) जाचो भोवमान जाला असो; नांवारुपाक आयिल्लो; नामनेचो.

laurels (n) जैत वा व्हड कवी म्हणून नामना जोडिल्ल्याक भेटयतात ती एके जातीच्या पानांची माळ; भोवमान.

lava (n) (घो) लावा; ज्वालामुखींतल्यान भायर सरपी पाझर; सळसळीत ऐस.

lavatory (n) मोरी, मुत्री, संडास बी आशिल्ली भौशीक सुवात.

lavender (n) परमळीत फुलांचें एक झाड.

lavish (adj) चड पीक दिवपी; चड खर्च करपी; हातान सदळ; हिसपाभायर मोडपी; घे म्हणून दुसऱ्याची तोखणाय करपी; उदार मनान दान करपी; पाठ्यो बी दिवपी; • **(v)** कसलेंय काम करतना शीम हुपप; दुसऱ्याचें अती कौतूक करप; सुमाराभायर खर्च करप.

law (n) कायदो, कायद्याची मांडावळ; कायद्याचें शास्त्र; विधि; सिद्धांत; नेम; • **law-abiding (adj)** कायदे पाळपी; कायद्यान चलपी; • **law-breaker**

n) कायदे मोडपी; • **lawful (adj)** कायद्याचो; कायदेशीर; • **lawless (adj)** कायदे ना असो; कायदे चलनात असो; कायदे मानिना असो (जमो); • **lawsuit (n)** न्यायालयांत व्हेल्ली फिर्याद; खटलो; • **lawyer (n)** आदवोगाद; ॲडवोकेट; वकील.

lawn (n) (घो) लॉन; हरयाळी रोवन एकतळ केल्ली सुवात.

lax (adj) वर्तनान धील; शिस्त नाशिल्लो; बेशिस्त; नेम पाळनाशिल्लो; सदळ.

laxative (n) भायरी; • **(adj)** कोठो सदळ करपी.

lay (v) खाला पातळावप; मांडप; उडोवप; थातारप; लादप; मोखप; तयार करप; सादर करप; आड पडप; फांकारप; (तांतयां) घालप; (किचांट) घालप; (दावाक, पैजेक) लावप; लिपून रावन हल्लो करप; • **(n)** कवनकाणी; • **(adj)** सामान्य लोकांतलो; पुरयत वर्गांतलो न्हय वा तज्ञांतलो न्हय असो.

layer (n) तांतयां घालपी कुकड; □ थर; लेप; दाटाय.

layette (n) जल्माक येवपी बाळकापासत वा जल्माक आयिल्ल्या भुरग्याखातीर केल्लीं आंगलीं, हातूण बी.

layman (n) सामान्य मनीस.

layout (n) मांडावळ;. नकसो; वाडी; आंखणी; मांडणी.

lazy (adj) आळशी; सुस्त; वावर टाळपी; न्हिदसुरो.

lea (n) चरवाचें मळ.

lead (n) शिशें; लाप्सांतली काडी; छापखान्यांतली शिशाची पट्टी; □ मुखेलपण; फुडारीपण; फुडाकार; वयली सुवात; □ नाटकांतलें मुखेल पात्र; □ सुण्याची दोरी; सांखळ; • **(v)** आपणें फुडें रावन वाट दाखोवप; मार्गदर्शन करप; फुडारपण करप; मुखेली जावप; • **leader (n)** फुडारी; मुखेली; पाटांगडो; □ अग्रलेख; • **leadership (n)** फुडारपण; फुडारी.

leaf (n) झाडाचें पान; खोलो; खोली; शिरती; □ पुस्तकाचें पान; • **leaflet (n)** छापिल्लें पत्रक; पुस्तिका; • **leafy (adj)** पानांचो; पानांनी भरिल्लो.

league (n) (लोकाचो; देसांचो) संघ; सर्तीच्या खेळांत वांटो घेवपी संस्थांचो संघ; पांच किलोमिटर वा तीन मैलांचें अंतर; एक कोस अंतर.

leak (n) वेर; चील; बोंथो; गळटी; • **(v)** गळप; पातेवप; पोंवप; भायर सरप; (म्हायती) फुटप; (परिक्षेचे पेपर) फुटप; • **leakage (n)** गळटी.

lean (adj) दुर्बळ; बारीक; किडकिडीत; एकशिवड; • **(v)** वणखप; लंवडप; तेंकप; निंबून आसप.

leap (v) उडकी, लाग मारप; उडी मारप; घालून घेवप; • **(n)** उडकी; उडी; लाग; • **leap year (n)** उपरी वर्स □ 366 दिसांचें वर्स; फेब्रुवारीक 29 दीस आसतात तें वर्स.

learn (v) शिकप; शिकून घेवप; गिन्यान जोडप; कळप; • **learn by heart (v)** तोंडपाठ करप; • **learned (adj)** विद्वान; पंडित; जाणकार; ऊंचल्या पांवड्याचें शिकप घेतिल्लो; • **learning (n)** गिन्यान; विद्वत्ता; जाणवाय.

lease (n) भाड्याची कबलात; खंडाची थारावणी; • **(v)** भाड्याची कबलात करून दिवप, घेवप; खंडाक दिवप; खंडाक घेवप.

leash (n) सुण्याक बांदपाची वादी, सरपळी.

least (adj) उण्यांत उणो; न्हानांत न्हान.

leather (n) चाम; चामडें; कात; •

leathery (adj) वातड; चिवट.

leave (v) (सुवात, नोकरी वी) सोडून वचप; काडून वचप; सांडप; अर्द्यर सोडप, (दुसऱ्या सुवादीन) करून वचप; फाटल्यान दवरून वचप; संवसार सोडप; • **(n)** रजा; सुटी; □ (जाय तें करूंक) मेकळीक; निरोप.

leaven (n) यिस्ट; खमीर; मेळाय; □ एकादशे पदार्थ आमेवंक वा फुगोवंक घालचो जिनस; • **(v)** मेळायां घालप; आंबेवंक घालप; फुगीक घालप.

lectern (n) जाचेर पुस्तक उकतें दवरून वाचूंक येता असो स्टँड; ग्रंथमंच.

lecture (n) व्याख्यान; प्रवचन; भाशण; उलोवप; • **(v)** व्याख्यान दिवप; • **lecturer (n)** व्याख्यान दिवपी; विद्यापिठातलो वा म्हाविद्यालयातलो प्राध्यापक.

ledge (n) वणटीक वा जेन्नाक फळी कशी लायिल्ली फातर; □ फळ्याक बसयल्ली खट्ट दवरपाची पट्टी.

ledger (n) हिसबा-पटी; खातें-चोपडी; खतावणी.

lee (n) आडस; आलाशिरो.

leech (n) जळू; □ दुसऱ्याक जळवेभाशेन लुचून फायदो काडपी मनीस.

leek (n) एके जातीचो कांदो; पातयेचो कांदो.

leer (v) वांकडे नदरेन पळोवप; दुस्वासान, नसायेन पळोवप.

lees (n) कसय; सोऱ्याचे बाटलेंत जमिल्लो गाळ; मड्डी.

left (adj) दावो; • **leftist (adj)** दावे विचारसरणेचो; समाजवादी; • **(n)** दावी वट; दावी दिशा; • **left-handed (adj)** दावखुरो; • **left overs (n)** उरटें; सांडिल्लें; उरिल्लें; इबाडिल्लो खाणा-जेवणाचो जिनस.

leg (n) पांय; (मेजाचो वी) खूर; □ थाणें; • **fleshy part of the leg (n)** जांगड; पोवठ.

legacy (n) मृत्युपत्राप्रमाण, इत्सापत्राप्रमाण मेळिल्ली देण; □ दायज; येरांस.

legal (adj) कायद्यासंबंदीत; कायद्यान बरोबर; कायदेशीर; वैध; • **legalize (v)** (जें कायद्याक धरून ना तें) कायदेशीर करप.

legate (v) दानपत्र बरोवप; आस्पतीचो वारस, येरदेरी घारावप; • **(n)** पापसायबाचो दूत.

legation (n) दुतावास; दुताची गवतिका.

legend (n) आख्यायिका; दंतकथा; पुराण-कथा; कल्पित कथा; □ माथाळो; शिर्शक; □ नाणें वा पदकाचेर कोरांतिल्लीं उतरां; नकाशार दिल्ली कुरवांची फोडणशी; • **legendary (adj)** आख्यायिकेंत वर्णिल्लो (पराक्रम वा पराक्रमी व्यक्ती); चड वड आनी चड बरी जाल्ल्यान चड नामनेची (व्यक्ती).

leggy (adj) लांब पांयांचो.

legible (adj) (अक्षर, बरप) वाचूंक येता अशें; स्पश्ट; निगूत; सुवाच्य.

legion (n) सैनिकी पंगड.

legislate (v) कायदे करप; • **legislation (n)** केल्ले कायदे; • **legislature (n)** विधिमंडळ; • **legislative assembly (n)** विधानसभा; • **legislative council (n)** विधानपरिषद.

legitimate (adj) कायद्याचो; कायद्यान सारको; नेमांक धरून आशिल्लो; □ (भुरगें) औरस; एकामेकांकडेन लग्न जाल्ल्या आवय-बापायचें.

legumes (n) कड्डण (हाच्या दाण्यांक

धापो आसतात. देखीक चणे, मूग बी).

leisure (n) मेकळो वेळ; उसरपत; फुरसत; थार.

lemon (n) लिंबू; लिंबीण; □ लिंबाचो रंग; • **lemon grass** (n) गंजन.

lemur (n) वानरासारको एक प्राणी.

lend (v) उश्णो दिवप; उदार दिवप; पयशे कळंतराक दिवप; भाड्याक दिवप; □ ओंपप; प्रदान करप; • **lender** (n) सावकार; रीण दिवपी; वस्तू भाड्याक दिवपी.

length (n) लांबाय; □ अंतर.

lenient (adj) दयाळ; मोगाळ; कडक न्हय असो; काकूट करपी.

lens (n) (घो) लॅन्स; ओक्लाचो दोळो (हारसो); कॅमेऱ्याचे भींग.

Lent (n) कोरेज्म; क्रिस्तांवांचे पास्कां परबे पयलींचे पथाचे चाळीस दीस.

lentil (n) मसूर.

Leo (n) शींव रास.

leonine (adj) शिंवासारको.

leopard (n) वागाची एक जात; बिबटो.

leper (n) कुश्टरोगी; • **leprosy** (n) कुश्टरोग; रक्तपिती.

lesion (n) चवन; फाड; घाय.

less (adj) उणो; थोडो; • (prep) उणें, वजा; • **lessen** (v) उणो करप; उणो जावप; ल्हान जावप.

lessee (n) कबलातेन खंडाक वा भाड्याक घेवपी भाडेकार; कूळ; तोल्ल; मुंडकार; • **lessor** (n) भाड्याक दिवपी; खंडाक दिवपी.

lesson (n) लिसांव; शिकपाचो पाठ; शिक्षण; अणभव; देख.

let (v) भाड्याक दिवप; घेवप; (काम करूंक) मान्यताय दिवप.

let down (v) विस्वासघात करप; ऐन वेळार कूस मारप; निरास करप.

lethal (adj) जीव घेवपी; प्राण काडपी; मारेकार.

lethargy (n) आळसाय; आदामत; • **lethargic** (adj) सुस्त; जड; न्हिदसुरो; आळशी.

letter (n) अक्षर; □ कागद; पत्र; चीट.

leucoderma (n) कोड; कातीक धवीं खतां पडपाची पिडा.

level (n) तळ; थर; पांवडो; समांतर वांटो; • (v) एका तळार हाडप; सारको करप; तीर धरप; मातयेभरवण करप; • **level crossing** (n) आगगाडयेचे रूळ हुपचेली मार्गाची सुवात; • **level-headed** (adj) समजिकायेचो; शांत सभावाचो; कालेतीन थंड; • **level off** (v) एका तळार हाडप; एका तळार करप; तळ करप.

lever (n) वजनाचो जड गुळो हालोवपाखातीर वापरपाचें लवंग; लांब पारय; उटाळें; लाट; • (v) लवंगान हालोवप; • **leverage** (n) लवंगाक लागून आयिल्ली तांक (जड गुळो वस्त हालोवपाची); □ प्रभाव; वजन; पत.

leviathan (n) (बायबलांत) दर्यांतलो एक म्हाभयंकर प्राणी; □ जबरदस्त, खडेगांठ अशें कितेंय.

levitate (v) जड वस्त वयर उबारून अंतराळांत हुमकळावप (दैवी बळान).

levity (n) चवचालपण; तिट्टीटेपण; गंभीर गजाली वयलेवयर मानपाची वज.

levy (n) वसुली; सक्तीची पटी; कर; फौजेंत सक्तीन भरती; • (v) कर लागू करप; फौजेंत सक्तीन भरती करप.

lewd (adj) असभ्य; पोजडो; कामी; वर्तनान उणाक.

lexicon (n) शब्दकोश; उतरां-भांडार; • **lexicographer** (n) शब्दकोशकार.

liability (n) जाका लागून तुमकान जाता असो मनीस वा वस्त; त्रास दिवपी मनीस वा कितेय; □ तडीक पावोवपाचें आंगार घेतिल्लें काम; • **liabilities** (n) देणीं; रिणां; फारीक करपाचे हवाले.

liable (adj) कायद्यान बांदिल्लो; पोंगेखाला आशिल्लो; जाचेर आरोप दवरूं येत असो; □ लगनीक; फारीक करूक जबाबदार; उत्तरदायी.

liaison (n) संबद; संपर्क; नातें; □ व्यभिचार; अनैतिक संबंद.

liar (n) फटींग; फटी मारपी व्यक्ती; असत्य उलोवपी मनीस.

libation (n) देवाक अर्पण केल्लें पिवन, पेय; तर्पण केल्लें उदक.

libel (n) निंदा, नालस्ती करपी बरप; लेखी बदनामी; दुसऱ्याची अपकीर्त करपी बरप; बदनामीचो लेख, मजकूर.

liberal (adj) उदार; मनमेकळो; उकत्या मनाचो; व्यक्तीस्वातंत्र्यवादी; पूर्वग्रह बाळगिना असो; विचारांनी सुधारवादी; उदारवादी, □ चकचकाळ; जायतो; थे म्हणून; भरपूर; • **liberalism** (n) उदारमतवाद.

liberate (v) मुक्त करप; बंदेणातल्यान सोडोवप; स्वतंत्र करप; • **liberator** (n) मुक्ती दिवपी; स्वतंत्र करपी; बंदखणीतल्यान सोडोवपी; • **liberation** (n) मुक्ती; स्वातंत्र्य; बांदवामातल्यान मेकळीक; सुटका.

libertine (adj) वाकडे चालीचो; व्यभिचारी; शिंदळकी करपी.

liberty (n) मुक्ती; स्वातंत्र्य; बंदखणीतल्यान सुटका; मेकळीक; □ सुबेजपण.

Libra (n) तूळ रास.

librarian (n) ग्रंथपाल; वाचनालयाचो कारभारी; • **library** (n) वाचनालय; ग्रंथसंग्रह; ग्रंथालय; कॅसेटी वा रिकार्डींचो संग्रह.

libretto (n) माचयेर करपाच्या खेळाचें वा संगितिकेचें बरप.

lice (n) उयो; लिखो; • **louse** (n) ऊय.

licence (n) (धों) लायसन्स; लिसेंस; लेखी परवानगी वा मान्यताय; अनुज्ञापत्र; सरकारी परवानो; □ रजा, मुटी; □ मनद; दाखलो; मर्यादेतलें स्वातंत्र्य; अती मेकळीक; बेजबाबदार वर्तन; • (v) परवानगी, मान्यताय दिवप; • **driving licence** (n) गाडी चलोवपाचो सरकारी परवानो.

licentious (adj) व्यभिचारी; भायल्या नादाक मवकल्लो; जाणें मर्यादा सोडल्या असो.

lichen (n) फातराचेर वा रुखां-कांडाचेर मांडिल्लो शेळो.

licit (adj) जाका मान्यताय आसा असो; कायद्याक मान्य; धर्माक मान्य.

lick (v) चाखप; चाटप; चाटून निवळ करप; लेंबप; • (n) जिबेन केल्लो स्पर्श.

lid (n) पांकणें; □ दोळ्या-पाती; मलपी.

lido (n) पेवपाचो वा आंगार वत घेवपाचो सुवात.

lie (v) फटी उलोवप; फटोवन विस्वासघात करप; □ आड पडप; पडून रावप; □ (धारावीक सुगतेर) आसप; आसपावप; • (n) फट; असत्य; तडडक; □ आकृताय; स्थिती; □ जनावरांनी, शेवण्यांची रावतिका; ठिकाण.

lien (n) रीण फारीक करीसर घाणाक दवरलेली वस्त ताब्यांत दवरपाचो हक; तारण हक; □ दावो.

lieutenant (n) (घो) लॅफ्टनंट; सैन्यांतलो एक अधिकारी; • **lieutenant governor (n)** उपराज्यपाल; नायब राज्यपाल.

life (n) जिवीत; जीव; प्राण; हयात; □ त्राण; जिवसाण; □ जीवसृश्ट; □ चरित्र; • **lifelong (adj)** जल्मजुगाचो; • **life history (n)** जिवीत-इतिहास; • **life insurance (n)** आयुर्विमो; • **life span (n)** जिवीत-काळ.

lifebelt (n) (घो) लायफ-बॅल्ट; (मनशाक) उदकांत उफेत दवरपी रबराचो तूब, ट्यूब.

lifeboat (n) तारूं बुडटना वा संकश्टांत सांपडल्यार वापरपाचें ल्हान होडें.

lift (v) उखलप; उबारप; □ वयर काडप; सरप; □ चोरप; सुतलावप; □ (कर्फ्यू बी) रद्द करप; (बंधन) काडप; □ उठप; फुडें सरप; • **(n)** (घो) (इमारतीचें) लिफ्ट; आपणाले गाडयेंतल्यान दुसऱ्याक व्हरप (लिफ्ट दिवप); वयर सरपाची संद.

ligament (n) सांद्यां-जोडणी; हाडां जोडपी खिळी.

ligature (n) शस्त्रक्रियेउपरांतची पट्टी; • **(v)** पट्टेन बांदप वा जोडप.

light (n) उजवाड; प्रकाश; □ दिवो; जोत; □ लखलख; परजळ; □ गिन्यान; • **(adj)** वजनान उणो; ल्हव; नाजूक; मंद; सोपो; • **(v)** पेटोवप; लासप; उजवाड घालप; लखलखाट करप; • **lighter (n)** (घो) लायटर; जेन्ना धक्याक तारूं लागना तेन्ना ह्या तारवावयल्या म्हालाची हाड-व्हर करपी होडें; □ दिवो पेटोवपी उपकरण; • **lighten (v)** दिवो पेटोवप; उजवाड करप, घालप; चकचकप; □ ल्हव करप; वजनाक उणो करप, जावप; उमेद हाडप; • **light fingered (adj)** सुतलावपी (व्यक्ती); • **light-headed (adj)** अविचारी; • **light-hearted (adj)** उमेदी; हांसत्या मुखामळाचो; • **lighthouse (n)** दीपस्तंभ; दीपगृह; फोलेर; उजवाडा-खांबो; • **lighting (n)** उजवाडा मांडावळ; प्रकाश येवजण; दीपरद्नां; • **lightly (adv)** सवकास; ल्हवू; □ वयले वयर; □ मनाक लावन घेनासतना; पर्वा करिनासतना.

lightning (n) जोगूल; वीज; जगलावणी.

lignite (n) एके जातीचो कोळसो.

like (v) मानप; आवडप; पसंत पडप; जाय दिसप; • **(adj)** समा; सारको; लागतो; फावसारको; • **(prep)** जसो; भाशेन; • **(adv)** तेचभाशेन, तेच प्रमाण; • **likely (adj)** शक्यताय आशिल्लो; फावोसो; जुळटा असो; आस्त दाखोवपी; मुखार येवचेलो, जावचेलो; • **(adv)** चड करून; • **like-minded (adj)** समविचारी; समवृत्तीचो; • **likewise (adv)** तेचभाशेन; प्रमाण; • **likelihood (n)** शक्यताय; संभव; • **liken (v)** तुळा करप; बराबरी करप; सर करप; • **likeness (n)** समानताय; बराबरी; एकसारकेपण; • **liking (n)** आवड; रूच; गोडी; ओड; खोस.

lilac (n) एक ल्हान फुलझाड; □ गुलाबी रंग.

lilliputian (adj) आकृतायेन सामके ल्हान मनीस (गलीवराचे भोंवडेंतले).

lilt (n) खोशयेचें गीत; • **(v)** खोशयेन गावप.

lily (n) लांब देंटाचें एक फुलझाड; ताचीं धवीं, गुलाबी, जांबळीं फुलां; □ साळीक, कमळ.

limb (n) अवयव; आंग; सांदो; हात

वा पांय; विसवो; □ बावळो; □ पांख; □ ताळी; खांदी.

limber (n) नाळ, तोफ ओडपाचो गाडो; • (adj) आंग जाय तशें मोडुंक येता असो; वांटे जोडुंक येता असो; लवको.

limbo (n) हुमकळणी; धड हांगाय ना आनी धंयूय ना अशी गत.

lime (n) चुनो; □ लिंबू; कोडुलिंबू; □ लिंबीण; • **limekiln** (n) चुन्याचें खोर्न; भट्टी; • **limestone** (n) चुनखडी; चुन्याचो फातर; • **limewater** (n) चुन्याची निवळी.

limelight (n) नामना; नांवरूप; फांक; उजवाड.

limerick (n) पांच ओळींचें विनोदी कडवें; वात्रटिका.

limit (n) शीम, मेर; नीस; □ आवाठ; आडावण; मर्याद; अंतपार; □ मुजत; • (v) शीम मेर घालप; आवाठाभितर दवरप; नीस पुरप; • **limitless** (adj) अंतपार नाशिल्लो; शिमेन आडावक जायना असो; विशाळ; अमर्याद.

limousine (n) मोटारीचो एक प्रकार.

limp (adj) विळविळीत; घटसाण नाशिल्लो; निर्जीव; गळसाणिल्लो; • (v) लंगड्त चलप; कुटप.

limpet (n) कालवांचो एक प्रकार; कर्पात दसून रावपी नुस्त्याची एक जात; □ कित्याकूय दसून रावपी व्यक्ती.

limpid (adj) निवळ; निर्मळ; स्पश्ट; निगूत.

linchpin (n) गाडयेच्या वा यंत्राच्या चक्राची खोळ; कडाणी; कवागी; चिमटी.

line (n) दोरी; राजू; सरी (कपडे सुकत घात्लूंक वी); आडी; ओळ (लाप्सान वी मारिल्ली); मिरी; गांज; □ रांक; हार; पंगत; माळ; अनुक्रम; □ लहान चीट (एक ओळभर बरप); □ वंशावळ; □ दिशा; □ (रेल्वे) रूळ; □ (पायप) लायन; □ बरयल्ली ओळ; □ आडी; □ वेवसाय; • (v) रांकेत रावप; हारीन रावप; पंगत मांडप; • **lineage** (n) वंशावळ (पूत, नातू, पणतू वा बापूय, आजो, पणजो बी); वाडवडील; • **lineament** (n) आंगलोट; जायेस, मुखामळ; आकृताय; रुपकार; • **linear** (adj) ओळींचो; लांबायेचो.

linen (n) एके तरेचें तुगट; सणी सुतार्चे तुगट.

liner (n) नेमान येवादारी करपी बोट वा विमान.

linger (v) फाटीं रावप; मिरोवप; सवकास भायर सरप; दिर्गा लावप; कळाव करप; (वास, रूच) बरोच वेळ घोळत रावप.

lingerie (n) बायलांचें अंतर्वस्त्र.

lingo (n) भास, चड करून जी हेर लोकांक समजना ती.

lingua franca (n) लोकभास; सगळ्यांक कळसारकी भास; • **lingual** (adj) भाशेसंबंदीत; जिबेसंबंदीत; मुर्धन्य; • **linguist** (n) भासपंडित; भास-शास्त्री; • **linguistics** (n) भासविज्ञान; भासशास्त्र.

liniment (n) कातीक चोळपाचें तेल.

lining (n) फोर; आंगाच्याक भितल्यान दाटायेक धरतात तें तुगट.

link (n) सरपळेची मुदी; संबंद; नातें; जोडणी; लागती; • (v) जुळप; जुळोवप; जोडप; मेळोवप; एकठावप.

links (n) गोल्फ खेळपाचें मळ; □ दर्या-कांठची सपाट भूंय.

linoleum (n) भुंयेर पातळावपाच्या जाजमाचो एक प्रकार.

linseed (n) सणमियां.

lint (n) घायार बांदपाचें एके वटेन

गोव लुगट.

lintel (n) दारावयलें वा जंगेवयलें (जनेलावयलें) आडबेर; फिचात्र; ताडसफळें.

lion (n) शींव; • **lioness (n)** शिंवीण.

lip (n) ओंठ; आयदनाचो कांठ; • **corner of the lips (n)** वाळवो; • **hare lip (n)** भाण; • **thick lips (n)** बाबरे ओंठ.

liquefy (v) जिनस पातळ करप.

liqueur (n) (घो) लीकर; एक मद्यप्रकार.

liquid (adj) पातळ; व्हांवतो (जो घट न्हय आनी वायरुपांत ना); • **(n)** द्रव; उदकाभाशेन पातळ व्हांवती वस्त; □ निव्वळ, रोख रुपांतली आस्पत.

liquidate (v) धंदो गुठलावप; (व्यापार वेव्हार) बंद करप; दिवाळें काडप; सोंपोवप; • **liquidation (n)** दिवाळें.

liquidity (n) दुडवांचें बळ; अर्थीक सोपेपण.

liquor (n) एक मद्यप्रकार.

liquorice, licorice (n) ज्येश्ठमध; वखदाचो एक घटक; गोडसाण दिवपी जिनस.

lisp (v) लुडबें, चोंचरें उलोवप.

lissom (adj) सुडसुडीत; चपळ.

list (n) जंत्री; यादी; वळेरी; पट; • **(v)** जंत्री, यादी, वळेरी करप; वळेरेंत आसपावन घेवप; □ लंवडप; वणखप.

listen (v) लक्ष दिवनं आयकप; कान दिवप; □ सांगिल्लें करप; • **listener (n)** आयकुपी; श्रोता.

listless (adj) उमेद नाशिल्लो; कांयच लागना असो.

litany (n) भौशीक, रासवळ मागणें; प्रार्थना; □ लादीन.

literal (adj) (अर्थ) उतरांप्रमाण घेतिल्लो; शब्दार्थाप्रमाण केल्लो; जशाक तसो; • **literally (adv)** उतराप्रमाण.

literary (adj) साहित्यासंबंदीत; साहित्याची जाण आशिल्ली (व्यक्ती); साहित्यिक (मासिक).

literate (adj) वाचूंक-बरोवंक जाणा असो; शिक्षित; जाणें खूब वाचन केलां असो; • **literacy (n)** साक्षरता; सादारणशें वाचूंक-बरोवंक येवप.

literati (n) विद्वान लोक; साहित्यकार; • **litterateur (n)** साहित्यकार; नामनेचो लेखक.

literatim (adv) उतरांप्रमाण; मुदलांत बरयलां तशें; मातूय बदलनासतना.

literature (n) साहित्य; वांगमय.

lithe (adj) जो जाय तसो मोडटा, बागवता असो (नाच करपी).

lithography (n) कोंरातिल्ले फातरीन छापचेली कला; शिलामुद्रण.

litigant (n) फिर्याद करपी; पक्षकार; वादी.

litmus paper (n) एक कागद जो आम्लांत तांबडो आनी क्षारांत निळो जाता.

litre (n) लीटर; पातळ जिनस मेजपाचें माप.

litter (n) माचूल; पालखी; दोळ; □ पिडेस्ताक हाड-व्हर करपाचें हांतरूण (स्ट्रेचर); □ मार्गावयलो कचप, कागदा-कुडके बी; □ पिलावळ; वीत; □ घोड्याक बसपाक पातळायल्लें तण; □ शेताक घालपाची शेण आनी कचप हांची भरस; • **(v)** कचप शिपडावन घाण करप; पसारो पातळावप; तण पातळावप; □ वियेवप.

little (adj) ल्हान; धाकटो; □ थोडो; उणो; इल्लो; कांय; □ सामान्य; □ मोटवो; गिड्डो.

littoral (adj) दयदिगेवयलो.

liturgy (n) इगर्जेरिवाज; पुजेची रीत.

liveable (adj) रावपासारको; सांगाताक रावंक योग्य; □ जियेवपासारको; सोंसपासारको.

live (v) जियेवप; जगप; जितो उरप; जितो आसप; वांचून उरप; □ तगप; □ दीस सारप; □ रावप; □ अणभव घेवप; भोगप; • (adj) जितो; जिवो; जीव आशिल्लो; तट्टटीत; सद्याचो; जिवी (वायर); (जितो) बॉम; जितो-जागतो; चलता ती (कार्यावळ); • **living** (adj) जीव आशिल्लो; जितो (प्राणी); **living-room** (n) घरांतलें बसपा-उठपाचें साल वा कूड.

livelihood (n) उपजिविका; सवसारात जियेवपाखातीर वावर-धंदो.

lively (adj) रसरशीत; उमेदी; □ जिवो तट्टटीत; खरोच कसो.

liver (n) यकृत; फिग्द; लीवर.

livery (n) राजघराण्यांतल्या वा मत्रालयातल्या बी चाकराची खाशेली न्हेसणा; वर्दी; साज.

livestock (n) पोशिल्लीं जनावरां (गोरवा, मेढरां, दुकरां, बोकडा बी).

livid (adj) काळसार-निळसार रंगाचो.

lizard (n) गार; शिल्लो, शेड्डो, तोपयो बी.

llama (n) म्हाल हाड-व्हर करपी एक जनावर (अमेरिकेंत).

load (n) ओजें; भार; वजन; □ फावट; • (v) भार घालप; भरप.

loaf (v) हेडप; बेकार भोंवप; • (n) पाव.

loam (n) चिकणमाती.

loan (n) रीण; कर्ज; उसणी दिल्ली वस्त वा पयशे; उदारेन दिल्लो जिनस; • **loanee** (n) रिणकार; देणेंकार.

loath (adj) मानूंक तयार ना असो; प्रतिकूळ.

loathe (v) नसाय, तिरस्कार करप; खर दुस्वास करप.

lob (v) पेल्ल ऊंच उडोवप; उसळावप, सवकास उडोवप; □ कशायकशें चलप.

lobby (n) (घो) लॉबी; पडवी; वसरो; भायलें साल; कक्ष; □ आपल्या कामापासत सरकाराचेर वजन घालपी पंगड.

lobe (n) कसल्याय अवयवाचो वाटकुळी पाती कसो कडेचो भाग; कानपाळी.

lobster (n) वागी.

local (adj) थळावो; स्थानिक; जाग्याचो; गांवचो; • **locality** (n) थळ; सुवात; वसणूक; • **locate** (v) खंय आसा तो सोदून काडप; पत्तो लावप, लागप; नामो मेळोवप; जाग्यार थीर करप; • **location** (n) सुवात; थळ; ठिकाण; थाणें.

lock (n) कलयाद; कुलप; ताळें; □ तुबकाचो घोडो (चाप); □ आडावण; □ केसाची मुदी; • **locker** (n) (घो) लॉकर; मोलादीक वस्तू दवरपाची खणांची आरमार; बँकेतलो लॉकर; • **lockout** (n) टाळेबंदी; • **locksmith** (n) कुलपां करपी वा दुरुस्त करपी मनीस; • **lock-up** (n) पोलीस-कोठी.

locket (n) (घो) लॉकेट; गळ्यांतलें तावज.

locomotive (n) रेल गाडयेचें इंजीन.

locum (n) जो आसपाचो तो नाशिल्ल्यान ताचे सुवातेर दुसरो काम पळोवपी (वैज, पाद्री बी).

locust (n) तोळ; • **locust swarm** (n) तोळधाड.

locution (n) उलोवपाची तरा; वाक्प्रचार.

lode (n) खनीज आशिल्ली खणींतली शीर.

lodestar (n) बोटीक दिशा दाखोवपी नक्षत्र; ध्रूव नक्षत्र.

lodestone (n) लोहचुंबक.

lodge (n) (घो) लॉज; भाड्यान रावपाची सुवात; □ व्हडल्या घराक तेंकून बांदिल्लें लॉज; • **(v)** हॉटेलांत कूड भाड्याक घेवन रावप; □ (तक्रार) करप; (आरोप) दवरप; • **lodger (n)** हॉटेलांत भाडें फारीक करून रावपी; • **lodging (n)** भाड्याची रावतिका; वसते-घर.

loft (n) माळय; माळो; पोटमाळो.

lofty (adj) ऊंचलो; उबार; वरतो; दिग्ग; □ उर्बेवंत; उदात्त; □ गर्विश्ट; बडायांचो; अहंकारी; हंतमी.

log (n) झाडाचें लाट; होंडको; लोटिंगो; □ सुस्त मनीस.

log-book (n) (घो) लॉग बूक; □ नोंद-पटी; • **(v)** लॉग बुकांत नोंद करप.

loggerheads (n) मूर्ख; बोंडर; तकलेन गड्डो मनीस; • **at loggerheads:** तोंड लागिल्लें आसप; झगडत आसप.

logic (n) तर्कशास्त्र; युक्तिवाद.

logistics (n) सैन्याची मांडणी; झुजा वेळार सैन्याची केल्ली रचणूक.

loin (n) कमर; हांड; □ जनावराच्या फाटल्या जांगडाचें मांस; • **loincloth (n)** आंगस्तर; लुंगी.

loiter (v) हटमटवळां करीत भोंवप; हुमकळत भोंवप; हेडप; कामाच्या वेळाचो इबाड करप.

loll (v) सुस्त पडून रावप; (सुण्यान बी) जीब लोंबकळायत रावप.

lollipop (n) लॉलीपॉप; काडयेक लायिल्ली चॉकलेट वा पिपिरमीट.

lolly (n) आयसफ्रूट.

lone (adj) एकलो; एकसुरो; एकमुळो; वेगळो; सांगाताक कोण ना असो; • **lonely (adv)** एकोडो; एकसुरो; एकमुळो.

long (adj) लांब; दीर्घ; व्हड; • **(v)** लालेवप; आंवडेवप; वाट पळोवप; व्हरस लागप; • **(adv)** कळावान; जायतो काळ मेरेन; • **long over (adv)** शेकानशेक; • **long-ago (adv)** आदल्या काळा; पुरातन काळा; खूब पयलीं; • **long cloth (n)** एलिफांत; माजरपाट; एक धवें लुगट; • **long dozen (n)** तेरा; • **long-eared (adj)** लांब कानांचो; गाढव कसो; • **long faced (adj)** निर्शेल्ले नुरेचो; • **longhand (n)** चालंत लिपी; • **long-headed (adj)** बुदवंत; शिटूक; • **long jump (n)** लांब उडी; • **long-sighted (adj)** दीर्घदृश्टी; दृश्टो; लांब नदरेचो; जाका दिश्टावो जाला असो; फुडाराचो अदमास घेवपी; □ पयसुलें दिसता पूण लागचें दिसना असो; • **long-standing (adj)** जायतो काळ चलपी; जायतो काळ चलत आशिल्ले (प्रस्न); कदीमकाळचो; पुर्विल्लो; • **long-suffering (adj)** सोंसणिकायेचो; • **long-term (adj)** लांब, चड काळाखातीरचो.

longevity (n) लांब जिवीत; दीर्घायुश्य.

longing (n) उमळशीक; उत्फरके; अश्रेकणी.

longitude (n) रेखांश; अंतर दाखोवपी भूगोलांतलें एक उतर.

longshoreman (n) बोटीच्या धक्यावयलो हमाल; मानाय.

loo (n) मुत्री.

loofah (n) न्हातना आंग घांसपाखातीर वापरपाची एक साल.

look (n) दिश्ट; नदर; रूप; आकृताय;

मुरा; तोंड; रुपकार; • (v) पळोवप; देखप; चोवप; दिसप; लागप; वाट पळोवप; आस्त धरप; पगटावप; • look after (v) पळोवप; जतनाय घेवप; उस्तवारी काडप; पतकर घेवप; राखप; • look back (v) फाटल्यान पळोवप; फाटले उगडास काडप; याद करप; स्मरण करप; • look down (v) किकोंत लेखप; तुच्छतायेन पळोवप; किरकोळावप; कसपटावप; कुसकुटावप; • look for (v) सोदप; वाट पळोवप; तिश्टप; • look into (v) लक्ष घालप; खोलायेन येवजप; • looking glass (n) हारसो; • look-out (n) तेळणी; जाचें तांचें काम; मत; नदर; □ देखावो; • look over (v) वयले वयर पळोवप; आडनदर करप.

loom (n) माग; • loom up (v) कितें तरी भयाचें अंधूकशें दिसप.

loon (n) उदकात बुडकी मारपी एक शेवणें; □ मूर्ख; आळशी मनीस.

loop (n) गोळ; कोयणी; □ रुळाचो फाटो; • (v) मोडण घेवप; कोयणी घालप.

loophole (n) वणटीचो बुगाक; खाच; □ पळवाट; चोरवाट; □ संद.

loose (adj) उकतो; मेकळो; सुटो; धील; सदळ; बादक ना असो; □ वर्तमान सदळ; व्यभिचारी; • (v) उकतो करप; उकतो जावप; धील करप; सदळ करप; सोडून दिवप; • loose tongued (adj) वडबडो; वाचाविदळ; तोंडाक येता तें उलोवपी; • loosen (v) सदळ जावप वा करप; सैलावप.

loot (n) लूट; चोरयेचो म्हाल; • (v) लुटप.

lop (v) (झाडाची खांदी) कातरप; बेणावप; बोडकावप; • (n) बेणणी; वर्सणी.

lop-eared (adj) लांब लोंबकळटया कानांचो (सोंशाच्या कानांभाशेन); lop-sided (adj) एक कड न्हान आशिल्ल्यान लकिल्लो; लंवडल्लो; असंतुलीत; एकेकडेन चड जाल्यार दुसरेकडेन उणो, न्हान.

lope (v) धेंपां मारून चलप.

loquacious (adj) वडबडो; जिबट; कित्याकितेंय उलोवपी.

lord (n) धनी; प्रदेशाचेर वा लोकाचेर सत्ता गाजोवपी; • Lord (n) इंग्लंडांतलें एक बिरुद; • the Lord (n) देव; जेजू क्रिस्त.

lore (n) विद्या; आदल्या काळासावन सांगून आयकून चलत आयिल्ली म्हायती.

lorgnette (n) काडयेच्या पोंताक बसयल्लो चश्मो.

lorry (n) (घो) लॉरी; ट्रक; म्हाल हाड-व्हर करपी वाहन.

lose (v) वगडावप; सांडप; शेणोवप; हार घेवप; हार पडप; लुसकानींत पडप; फाटी पडप; तनरी लागप; • loser (n) जाचेर हार पडल्या तो; हारिल्ली व्यक्ती; • loss (n) वगडावणी; लुसकान; बूट; घावटो; विद्घाट; नाशें; मरण; • lost (adj) शेणिल्लो; (खेळ) जिखूंक ना असो; हारिल्लो; वगडायल्ली (संद); • at a loss कितें करचें तें कळनाशिल्लो.

lot (n) वांटो; लोत; □ भाग्य; नशीब; अदृश्ट; निर्मण; □ रास; □ जमनीचो कुडको; • lots (n) राशी; वांटे.

lotion (n) (घो) लोशन; कातीक लावपाचो लेप.

lottery (n) (घो) लॉटरी; सोर्त; □ नशीब.

lotus (n) साळीक; कमळ.

loud (adj) (आवाज) मोटो; ऊंच; गाजघडघडाचो; कलकलाचो; □ (रंग)

भडक; • **(adv)** मोट्यान; व्हडान; • **loudspeaker (n)** (घो) लावडस्पीकर; आवाज वाडोवपी कोरनो; ध्वनीवर्धक.

lounge (v) सुस्तेवप; पडून रावप; हेडप; पासयो मारप; आळसायेंत वेळ घालोवप; • **(n)** (हॉटेलांतलें, विमानतळावयलें) बसपाचें साल.

louse (n) ऊय, हुलूक, किरट बी; • **big louse (n)** तोणो.

lout (n) रीत खवीस नाशिल्लो, अर्बट मनीस.

love (n) प्रेम; प्रीत; मोग; आपलेपण; आवड; छंद; नाद; पसंती; इश्टागत; अपुरबाय; □ प्रणय; शृंगार; □ (खेळांत) शून्य; • **(v)** प्रेम, मोग करप; अपुरबाय करप; आपलेपण दाखोवप; □ शृंगार करप; प्रणय करप; • **lovable (adj)** अपुरबायेचो; मोग करिसारको; • **love affair (n)** प्रेम प्रकरण; प्रेमसंबंद; • **love marriage (n)** प्रेमविवाह; प्रेम करून केल्लें लग्न; मोगान काजार; • **lover (n)** मोगी; प्रेमी; □ (खेळांचो, कलांचो बी) मोगी; • **loving (adj)** अपुरबायेचो; मोगाळ; प्रेमळ.

low (adj) बसको; बैठो; पांवड्यान सकयलो; (मोलान, संख्येन) उणो; □ (आवाज) मंद; बारीक; □ सकलाटेचो; खाला आशिल्लो; उथळ; □ **(adv)** सकयल; खाला; • **(v)** (गोरवांचें) हामेवप; • **lowland (n)** सकलाटेचो प्रदेस; सकलाट; दर्यासपाटेची भूंय; • **low tide (n)** सुकती; • **lower (v)** देंवोवप; खाला सोडप; • **(adj)** सकयल्लो; कनिश्ठ; पांवड्यान उणो.

loyal (adj) विस्वासू; प्रामाणिक; निश्ठावान; • **loyalty (n)** निश्ठा; स्वामीभक्ती.

lozenge (n) तोंडांत घोळोवपाची वखदा-गुळी वा पिपिरमीट; □ समचतुर्भूज.

lubricant (n) यंत्र-तेल; • **lubricate (v)** यंत्राक तेल घालप; बुळबुळीत करप; • **lubricity (n)** तेल घाल्ल्यान आयिल्ली बुळबुळसाण, सुळसुळसाण; □ वावर चुकोवपाची चलाखी.

lucent (adj) चकचकीत; परजळीत.

lucid (adj) स्पश्टपणान परगटायल्लो; समजूंक सोपो; समजिकायेचो; परजळीत; निर्मळ.

Lucifer (n) सैतान; फांतोडेवयलें शुक्र नक्षत्र; □ फस्काकाडी.

luck (n) नशीब; भाग्य; अदृश्ट; निर्मण; □ पांयसर; पांयगूण; • **luckless (adj)** अभागी; दुर्दैवी.

lucrative (adj) आदावाचो; फायद्याचो; जोडीचो.

lucre (n) (वायट मार्गान) दुडवांची जोड.

ludicrous (adj) अजीब; विलक्षण; हांशार व्हरपासारको.

ludo (n) भुरग्यांचो एक बैठो खेळ.

lug (v) फरफटून, घसटून ओडप; बळान ओडून व्हरप; • **(n)** ओडपाचें कडें; कांठ; □ कान.

luggage (n) (घो) लगेज; प्रवासांतलें सामान; मुस्तायकी.

lugubrious (adj) (घो) खंतभरीत; खंतेस्त; दुखेस्त.

lukewarm (adj) उळउळीत; धगमोडें; शेळमोडें; मोर्न.

lull (v) न्हिदावप; शांत करप; फटोवन थंडावप; • **(n)** (झुजाआदली, मोडापयलींची) थंडाय.

lullaby (n) आल्लय; भुरग्याक न्हिदावपाचें गीत.

lumbago (n) कमराचो कसकस; •

lumbar (adj) कमराचो; भेंडाचो.

lumber (n) पोरणें वापरनाशिल्लें सामान; कावल; कचकच; उपेगी पडनाशिल्ल्यो वस्तू; □ चिरिल्लें मदेर; • **(v)** बडबडत चलप; □ रानांतलीं झाडां मारप, चिरप.

lumen (n) (एका खिणाचो) उजवाड-झोत; **luminary (n)** (उजवाड दिवपी) नखेत्र; सूर्य; चंद; □ बुद्द वा तेज पगटावपी व्यक्ती; विद्वान; पंडित; • **luminous (adj)** पगळपी; उजवाड पातळावपी, काळ्यखात लुकलुकपी.

luminescent (adj) चकचकपी.

lump (n) दिकळ; गस; □ सूज; कट्टूल; धोंग; • **lumpsum (n)** एक हाती रक्कम; एके फावटीन दिल्ले पयशे; • **lumpish (adj)** जड गुळो; सुस्त.

lunacy (n) पिशेपण; □ कड चूक; मूर्खपण; • **lunatic (adj)** पिसो.

lunar (adj) चंद्राचो; चंद्राकार; • **lunate (adj)** वाड्टे चद्रकळेभाशेन.

lunch (n) मदल्या वेळावयलें खावप पियेवप; दनपारचे जेवण; • **(v)** दनपारचें जेवण घेवप; • **luncheon (n)** दनपारचें सारकें जेवण.

lung (n) फोपीस; फुप्फूस.

lunge (n) झोंपय; उडकी; □ घोडयाक बांदिल्ली लांब दोरी; • **(v)** तरसाद दी वावडप.

lupine (adj) येवलाभाशेन; कोलसुण्याभाशेन.

lupus (n) कातीचो क्षय.

lurch (v) अचकीत एकेकटेन लंवडप; घुंवप; घुमपप; • **(n)** गचको; झेल.

lure (n) हांयस; भूल; • **(v)** फुसलावप; हांयस दाखोवप.

lurid (adj) तांबडो भडक; उज्वा लोळाभाशेन; □ भयाभीत करपी; भेजटायणो.

lurk (v) उडी घालूंक आडमाक रावप.

luscious (adj) रुचीक; चड गोड; घमघमीत; ओढ्लायणो.

lush (adj) पाचवेचार; (तण) गल्न कशे मातिल्लें; रसरशीत.

lust (n) वानसा; भोगपाची ओढ.

lustre (n) लकलक; चकचक.

lute (n) गितारीभाशेन एक वाद्य; □ माती; शिमीट.

luxury (n) झगझग; ऊंच पांवडयाच्यो चैनीच्यो वस्तू; • **luxurious (adj)** झगझगीत; विलासी.

Lyceum (n) नामनेचो तत्वगिन्यानी ॲरिस्टोटल जंय शिकयतालो ती आथेन्स शारातली बाग; □ लिसेंव; शिक्षणसंस्था.

lye (n) मडवळखार; मुस्तायकी धुवचेली घूड.

lymph (n) लस.

lynch (v) (कायद्यान द्यावस्त दिवचे बदला) लोकानूच चांचावन मारप.

lyre (n) एक वाद्य.

lyric (n) भावगीत; • **lyricist (n)** गीतकार.

M m

M m रोमी अक्षरमाळेचें तेरावें अक्षर.

macabre (adj) भयांकृत; कांपरें हाडपी; भेसूर; बिभत्स.

macadam (adj) मार्गाखातीर केल्ल्या खडयेच्या थरांचो; • **(n)** खडयेच्या थरांचो मार्ग.

macaroni (n) (घो) मॅकरोनी; शेवयो.

macaroon (n) एक केकप्रकार; एक गोडशी बिस्कूत.

mace (n) गदा; □ हातांत धरपाचो दंड (राजदंड, द्वारपाल बी धरता तो दंड); □ जायपत्री (मसाल्याचो जिनस).

macerate (v) मोवसारप; भिजोवन मोव करप; मोव जावप; □ उपास बी करून जिवाक दंडणावप.

machination (n) कारस्थान; कूट; षड्यंत्र; घाडपण.

machine (n) (घो) माक्न; मशीन; यंत्र; • **machinery (n)** (घो) मशिनरी; यंत्रां; यंत्रसामुग्री; □ यंत्रणा; संघटना; रचणूक; • **machine-gun (n)** (घो) मशीनगन; फारांचो शिवर घालपी आर्म; • **machine-tool (n)** यंत्रीक आवृत.

mackerel (n) बांगडो; • **mackerel sky (n)** रंगारंगाचें मळब (जें पळोवन लोक बांगडे पडटले म्हणटात).

mackintosh (n) पावसाळ्यांत वापरपाचो चोगो; रेनकोट.

macrame (n) गांठींच्यो झालरी; झालरी विणपाची कला.

macro (adj) लांब; दीर्ग; खूब व्हड.

macula (n) कातीवयलो तीळ; वचना तसलें काळें खत.

mad (adj) (घो) मॅड; मालूक; पिसो; मन थाऱ्यार नाशिल्लो; खुबळळेलो; □ नादयो;. • **madden (v)** पिसो करप; चाळोवन घालप; विरार करप; • **madness (n)** पिशेपण.

madam (n) (बायलेखातीर मानाचें संबोधन) मॅडम; बाय; श्रीमतीजी.

made (adj) निर्मिल्लो; तयार केल्लो; □ जैतवंत; यशवंत; • **made-up (adj)** बनावट; कृत्रिम.

madonna (n) जेजूची आवय मारीय; हिचें पांयजेल, मुर्ती.

madrigal (n) प्रेमगीत.

maelstrom (n) उदकाक पडटा तो मोटो भोंवरो; □ चांचाळ.

maestro (n) संगिताचार्य; संगिताची कार्यावळ चलोवपी; संगीत शिकोवपी गुरु; मेस्त्री.

mafia (n) (सरकाराक आव्हान दिवपी)

खुनशी गुन्यावगारांचो पंगड.

magazine (n) नेमाळें; नियतकालिक; □ शस्त्रांची, दारुगुळ्याची कोठी; रायफलांत गुळयो मांडपाची सुवात.

magenta (n) (घो) माजेंता रंग; तांबसो-निळसो गाड रंग.

maggot (n) एक कीड; □ विचित्र येवजण; कोल्ल; कूय.

magic (n) जादू; चमत्कार; माया; भूल; करणी; फित्तीम; • **white magic (n)** देव-देवतांची होगवणी; • **black magic (n)** भुतांची होगवणी; • **magician (n)** जादूगार.

magistrate (n) गुन्यावगाराक क्षयास्त लावपी मुलकी अधिकारी; दंडाधिकारी; हो अधिकारी कांय थोडावीक आनी गंभीर स्वरुपाने नव्हय असले खटले चलयता.

Magna C(h)arta (n) इंग्लांडातले प्रजेन 1215 त जॉन राजाकडल्यान मेळयल्ली हकांची सनद.

magnanimous (adj) उदार मनाचो; उजू चलणुकेचो; महात्मा.

magnate (adj) प्रतिश्ठीत; जाचो मोटो व्यापार-धंदो चलता असो; जाचो गिरेस्त म्हणून भोवमान जाता असो; जाचो व्यापार-धंद्यात नांवलोकीक आसा असो.

magnesia (n) एक वखदी पदार्थ (पित्ताक वा भायरी म्हणून वापरतात).

magnet (n) (घो) मॅगनेट; लोहचुंबक; लोखण ओडून घेवपाची तांक आशिल्लो धातू; □ आकर्शणाची तांक आशिल्ली व्यक्ती वा वस्त; • **magnetic (adj)** चुंबकाभशेन आपलेवटेन ओडपी; भूल घालपी.

magnificent (adj) भव्य; सोबीत; राजेशाही; दबाज्याचो; व्हड जायेसाचो; अगडबंब; जो नेटोवपाक जायतो खर्च केला असो.

magnify (v) दोळ्यांक व्हड करून दाखोवप; (कसलीय गजाल) व्हड करून सांगप; • **magnifier (n)** वस्त व्हड करून दाखोवपी भींग (दुर्बीण).

magnitude (n) मोटपण; व्हड आकार; विशाळताय; म्हत्व; दिप्ती; लकलक.

magnum opus (n) म्हान कृती; साहित्यकाराची व्हड कृती.

magpie (n) कावळ्या जातींतलो एक पक्षी; □ वाचाळ, बडबडो मनीस.

mahogany (n) अमेरिकेंतलें एक झाड; ह्या झाडाच्या मदेचें फर्निचर करतात.

maid (n) आंकवार चली; लग्न जावंक नाशिल्ली बायल; • **maid-servant (n)** वावराडी; घरकामाक दवरलेली बायलमनीस.

maiden (adj) कुमारी; लग्न जावंक ना अशी; □ पयलेच फावटीचें (कार्य); • **maiden name (n)** बायलमनशेचें लग्नापयलींचें नांव वा आडनांव बी; • **maiden over (n)** क्रिकेटींतली सुकी ओवर (षांवड्यां विरयतची).

mail (n) (घो) मेल; पोस्ट; □ टपाल; डाक; टपालान धाडिल्लीं पत्रां वा वस्तू; □ मेल (आगगाडी); • **(v)** टपालान धाडप; • **coat of mail (n)** कवच; चिलखत.

maim (v) हातपांय कातरप; मोडून घालप; पाड घालप; वाट लावप; दुर्बळ करप.

main (adj) मुखेल; मुख्य; पयलो; व्हडलो; म्हत्वाचो; □ मुख्य (उदकाचो नळ वा बिजलेची सरी); • **mainly (adv)** चड करून; • **mainstay (n)** मुखेल थिगी; आलाशिरो.

mainland (n) मुखेल प्रदेश (भोंवतणचे जुंवे बी सोडून).

maintain (v) चालू दवरप; करीत रावप;

दावो करप; समर्थन करप; नेटान सांगप; आलाशिरो दिवप; फाटबळ दिवप; पोटा-पाणयाक दिवप; खर्च चलोवप; राखण करप; सांबाळप; • **maintenance (n)** राखण; सांबाळ; जतनाय; पोसवण; आलाशिरो; खाण-जेवण; दिसपट्टो खर्च; पोटगी.

maize (n) जोंदळो; बाजरी; मको.

majestic (adj) राजेशाही; दबाजीक; तेजवंत.

majesty (n) थाट; वैभव; भव्यताय; गिरेस्तकाय; दबाजो; म्हयमा; व्हडवीक; □ (संबोधन) म्हाराज; म्हाराणी.

major (adj) सज्ञान; जाणटो; (पिरायेन, म्हत्वान, आवाठान) वरिश्ठ; व्हडलो; □ सैन्यांतलो एक अधिकारी.

majority (n) भोवसंख्या; भोवमत; व्हडलो वांटो; अर्दापरस चड.

majuscule (n) रोमी व्हड अक्षर.

make (n) घडण; बनावट; सभाव; तरा; नांव; जायेस; निर्मणी; • **(v)** करप; तयार करप; निर्माण करप; उत्पन्न करप; जोडप; मानप; समजप; तड गांठप; सरी करप; • **make-up (n)** शृंगार; नेटोवणी; आखो-तिखो; प्रसाधन; रुपाची सोबिताय; भेस; घडण; • **maker (n)** तयार करपी; कर्तो.

makeshift (adj) तत्पुरतो; गरजेचो; कामापुरतो.

maladjustment (n) ताळमेळ बसनाशिल्ली अवस्था; जुळना वा जमना अशी अवस्था.

malady (n) पिडा; रोग; व्याधी; विकार; वायट; व्यथा; तकालस.

malafide (adj) वायट हेतून केल्लो; वांकडे चालीचो; कपट आशिल्लो.

malaise (n) जिवाक कश्ट; कसलोय रोग जावचेपयलीं कुडीक भोगता ती पिडा; कडामोड; जिवाक बरें नासप.

malaria (n) (घो) मलेरिया; कुडकुड्याचो जोर.

malcontent (adj) समाधान नाशिल्लो; खोशी नाशिल्लो; पिंरगणो.

male (n) नर; दादलो.

malediction (n) (घो) मालदिसांव; बिर्मत; स्राप; शिराप.

malefactor (n) गुन्यावगार; दुश्ट करणी करपी; अन्याय करपी; वायट करपी.

maleficent (adj) गुन्यावगारी; लुसकानेचो; अनिश्ट करपी.

malevolent (adj) दुसऱ्याचें वायट चिंतपी; दुस्वाशी.

malfeasance (n) गैरवर्तन; (अधिकाऱ्याचें बी) कायद्याभायलें काम.

malformation (n) दोश आशिल्ली घडण; विकृत वाड.

malfunction (v) (यंत्र बी) वायट, वांकडें, दोशपूर्ण चलप.

malice (n) मालीस; वांकडो हेत; दुस्वास; नसाय; • **malicious (adj)** दुस्वासाचो; कुसडो; कुण्णाटी; मनान वायट; डंखी; दुश्ट.

malign (v) कारण नासतना दुसऱ्याची निंदा करप; टवाळी करप; टिका करप; वायट उलोवप (तासप); • **malignant (adj)** लुसकान करपी; हिताआड आसपी; (रोग) घातमारो; जडार पडून जीव घेवपी; मारेकार.

malinger (v) वावर चुकोवंक कसलेंय नीब सांगप; बरो ना म्हणून तड्डक लावन रजा घेवप, वाडोवप; कामचोरपण करप.

mall (n) वाहनां व्हरूंक मेळनात अशी सुवात; भोंवपापासत पाखाडी घालून केल्ली वाट, पासय.

mallard (n) रानकोंबी; बक्याची एक जात.

malleable (adj) मोंव; वळोवंक जाता असो; जुळोवन घेवपी; जाय जाय तसो आकार दिवं येता असो.

mallet (n) कुटटी; तुतयो; हातोडो; □ पोलो खेळाची दांडी.

malnutrition (n) पुरटीक खाण-जेवण मेळनासतली वा साप उणें खाण-जेवण मेळटा अशी कुडीची अवस्था; कुपोशण.

malodorous (adj) घाणयामी; घाण मारता असो.

malpractice (n) गैरवापर, वाकडो वेव्हार; वाकडी करणी, मनेच्या स्थानाची अयोग्य फायद्यासमत कर्म घेतल्लो वापर उपेग, शिकिल्लेचेर उपाय करतना केल्ले दुर्लक्ष.

malt (n) बीयर, शिल्की करतांतलो कोंवळ्ल्ले आनी उसात भाजिल्ले मवाद; □ किस्केचो प्रकार.

maltreat (v) वायट वागणूक दिवप; छळावप; त्रास दिवप, शिडप; दगदग दिवप.

mam(m)a (n) भुग्यानें आवयक संबोधन; आई; मम्मा.

mammal (n) भुग्याक आपावपले दूद दिवपी प्राणी (मनीस धरून); स्तन्य प्राणी.

mammoth (adj) खूब कड; खूब मोटी (सभा); अगडबंब.

man (n) मनीस; दादलो; नर; मानव; □ मनीस-कूळ; □ चाकर; शिपाय, □ मानाय; • (v) पाय करप; भतो करप; • **manhood** (n) दादलेपण; पुरुशत्व; • **mankind** (n) मनीस-जात; • **manliness** (n) दादलेपण; भितांय; कणां; • **manlike** (adj) दादलो कसो; मनशाभशेन; • **manpower** (n) मनीसबळ.

manacle (n) हातबेडयो; खोडो; सांखळ; • (v) बेडयो, खोडो घालप.

manage (v) हाताळप; बंदिस्ती करप; कारभार चलोवप; सांबाळप; सांबाळून घेवप; नदर दवरप; शेकातळा दवरप; • **manager** (n) (घो) मॅनेजर; कारभारी; वेवस्थापक; • **manageable** (adj) हाताळूंक येत असो; आटापा येत असो; • **management** (n) वेवस्थापन; कारभार; कारभारी मडळ.

mandate (n) आदेश; आज्ञा; हुकूम; फर्मावणी; मुखत्यार-पत्र; वकीलनामो.

mandolin (n) एक ततूवाद्य.

mane (n) मानेचे केस; आयाळ; □ जटा; मालें.

man-eater (n) मनशाचे मास खावपी प्राणी, मनशाच्या गतायचे चेट लागिल्लो वाघ वी.

manful (adj) वीर; शूर; पराक्रमी; पुरुशार्थी.

manganese (n) एक धातू; (घो) मॅगनीझ.

manger (n) गवण; गोळ्यातली तण खावंक घालचेली सुवात.

mangle (v) चाचावप; वळवूंक येवचेनात अशे कुडके करप.

mango (n) आंबो (झाड); आंबो (फळ); • **raw mango** (n) तोर; • **sour mango** (n) पचर; • **mango stone** (n) काथो; कोय.

mangosteen (n) भिरण (झाड); भिरण, भिण्ण (फळ); • **juice of mangosteen** (n) अगळ.

mangrove (n) न्हयचे देंगेक चिखलांत जाल्लीं झोपां.

mangy (adj) कातीचो रोग जाल्लो प्राणी.

manhandle (v) आंगबळ वापरप; कशाकशें हाताळप.

manhole (n) भुंयेपोंदच्या गटारांत देंवपाचें मूख.

mania (n) व्यसन; छंद; पिशें; नाद; कैफ; □ आंगांत रिगिल्लो तुतनायक; उन्माद; मादान अवस्था; • **maniac** (adj) नादयो; कैफ चडिल्लो; मादान जाल्लो.

manicure (n) हात आनी नाखटांची जतनाय (नाखटां कातरप, रेखप बी).

manifest (v) उकतावप; व्यक्त करप; परगटावप; दाखोवप; वळेंत नोंदप; • (adj) उगडापो; स्पश्ट; जाची फोडणिशी दिवची गरज ना असो; • (n) जंत्री; • **manifestation** (n) परगटावणी; व्यक्त करप; प्रदर्शन, उगडापें रूप.

manifesto (n) उतरनामो; जाहीरनामो; घोशणा-पत्र; लोक-घोशणा; वेंचणुके वेळार मतदारांक बरोवन दिल्ली भास.

manifold (adj) तरेकवार; विंगड-विंगड; वेगळ्या-वेगळ्या तासांचो.

manipulate (v) (यंत्र बी) कुशळतायेन हाताळप; (यंत्राकडल्यान) काम घेवप; □ (हिशोब) आरते परते करप; (मतदारांक आपलेवटेन) घुंवडावप.

mannequin (n) पुतळो; बावलें (शोरुमांत दवरपाचें); (घो) मॉडेल.

manner (n) तरा; रीत; पद्धत; संवय; • **manners** (n) रीतरवीस; चलणूक; शिश्टाचार; कुळाचार.

manoeuvre (n) दावपेंचाचे नदरेन लस्कराची मांडावळ; □ हिकमत; • **manoeuvres** (n) मोट्यो लस्करी हालचाली.

manse (n) साधूंचो आश्रम; पाद्रींची रावतिका.

mansion (n) वाडो; बंगलो; व्हड घर.

mantilla (n) ओडणी; वोल.

mantle (n) बायलांचो हातकापो चोळो; □ गॅसाच्या दिव्याची जाळी; • (v) लिपोवप; गुठलावप.

manual (adj) हातांचो; हातांनी केल्लो; • (n) नेमावळ; नेमांची पुस्तिका.

manufacture (v) (कारखान्यांत) तयार करप; उत्पादन काडप.

manure (n) गांवठी सारें; सावड; सारें म्हणून घालपाचें शेण, पालो बी.

manuscript (n) हातबरपावळ; हस्तलिखीत; हातांनी बरयल्लो मजकूर, पुस्तक, नेमाळें बी.

many (adj) खूब; जायते; चड; • **many-sided** (adj) वेगळ्या वेगळ्या तासांचो, तरांचो, कडांचो बी.

map (n) नकसो; भुंयेचें, प्रदेसाचें बी कागदार काडिल्लें चित्र.

mar (v) इबाडप; वायट करप; (आनंदांत) विरजण घालप.

marathon race (n) लांब पल्ल्याची धांवडी.

maraud (v) लुटप; चोरप; लुटूंक घुरी घालप.

marble (n) (घो) मारबल; संगमरवर; पाशाण.

March (n) (घो) मार्च; क्रिस्ती वर्सांचो तिसरो म्हयनो; • **march** (n) मार्च; चाल; गती; पयण; • (v) फुडें सरप; मार्च करप.

mare (n) घोडी; गाढवीण.

margarine (n) (घो) मारगारीन; पाव, चपातेचेर सारोवपाचो बटरासारकोच एक जिनस.

margin (n) (घो) मार्जीन; समास; कागदाचेर बरयतना कुशीक सोडिल्लो जागो; कड; कांठ; □ गरजेपरस इल्लो वरकड वेळ, दुडू बी; • **marginal** (adj) कांठावयलो, कडेचो; पडंग; □ नगापुरतो

चड; □ समासांत बरयल्लो (मजकूर).

marigold (n) एक फुलझाड (हाका हळडुवीं ताल्ल फुलां जातात).

marijuana (n) हशीश; एक वनस्पत (हिच्या फुलांपानांचो पिठो सिगरेटींत घालून ओडटकूच कैफ येता).

marine (adj) दर्यातलो; दर्यात जाल्लो; □ तारू वा बोटींसबंदीत; • (n) दर्या वा भुंयेवयल्यान झुजपी शिपाय; • **mercantile marine** (n) व्यापारी तारवां; • **mariner** (n) तारवटी; खलाशी; • **mariner's compass** (n) होकायंत्र.

marionette (n) खाममुत्री बावलें; कठपुतली.

marital (adj) लग्नासंबंदीत; दांपत्यासबंदीत; धोव आनी बायल हांचो वा हांचेसंबंदीत

maritime (adj) दर्यांचो; दर्यांलागींचो.

mark (n) दाग; खत; कुरू; निशाणी; खुणा; चित्र; गुण; पावडो; म्हत्व; यश; मोख; • (v) खुणा वा निशाणी लावप; गुण दिवप; बरोबप; नोंद घेवप, करप; ध्यान दिवप; • **marking** (n) छाप; चित्र; निशाणी; कुरू.

market (n) (धो) मार्केट; पेठ, तिटो; व्यापाराचें ठिकाण; बाजार; सात; आगड; □ खप; • (v) पेठेंत किरो-विकरो करप; विकप; विकतो घेवप; • **market seat** (n) सोपो.

marl (n) भुयेंचो कस वाडूक सारें म्हण वापरचेली खाशेली माती.

marmalade (n) मुरबो; हालवो.

maroon (v) आडखळून उरप; एकोडो पडप; • (n) पुडी रंग.

marriage (n) लग्न; विवाह; शादी; काजार; • **marry** (v) लग्न करप; लग्न जावप.

marrow (n) सत्व; सार; चरबी.

Mars (n) मंगळ (गिरो).

marsh (n) न्हंय वा दर्यांकांठावयली रेवट सुवात; रेबकोड; गादोळ; बाबर; बुळबो.

marshal (n) (धो) मार्शल; फौजेंतलो ऊंचल्या पांवड्याचो अधिकारी; कार्यावळी मांडणेन चलोवपी अधिकारी; • (v) समारंभात पावण्याचें स्वागत करप; पावण्याक भितर घेवप, निरोप दिवप.

marsupium (n) पोतें; कांगारूक भुरग्याक दवरपाखातीर पोटाक आसता ती पोती.

mart (n) व्यापारी केंद्र; पेठ; व्हड दुकान.

martial (adj) झुजासंबंदीत; झुजामळावयलो; फौजेंतलो; □ मंगळासबंदीत; □ पराक्रमी; झुजांत वांटो घेवपाची आवड आशिल्लो; • **martial arts** (n) ज्युडो, कराटे बी मारामारीचे खेळ; • **martial law** (n) प्रदेशाचो ताबो लस्कराकडेन आसतना लागू जातात ते कायदे कानून.

martin (n) कोंगळे वर्गणांतलो पक्षी.

martyr (n) हुतात्मो; ध्येयापासत मरपी वा चड दगदग सोंसपी; • (v) मरणाची ख्यास्त दिवप; वळवळे करप.

marvel (n) अजाप; चमत्कार; • (v) अजाप करप; • **marvellous** (adj) चमत्काराचो; अजापाचो; अद्भूत; □ चड सुंदर; बेस बरो.

marzipan (n) बदाम आनी साकर कुटून केकार घालपाखातीर बी केल्लो पाक वा मलय.

mascot (n) माश्कोत; तावज; भाग्य उजळपी वस्त, जनावर वा मनीस.

masculine (adj) दादल्याच्या वर्गणांतलो; पुल्लिंगी.

mash (n) चटणी; कुंवळ; पोळोव; □ घोड्याक पियेवंक दिवचेलें आंबण; • **(v)** कुटप; चटणी करप; ओलो जिनस भरसप; □ मोगाचो खेळ करप.

mask (n) बुरखो; रुपडें; सवंग; मुखडो; • **(v)** रुपडें घालप; सवंग करप; लिपोवप.

mason (n) गंवडी; चिऱ्याची, विटांची बांदावळ करपी; • **masonry (n)** गंवडीकाम.

masquerade (n) रुपडें; सवंग; नाटक; • **(v)** रुपडें घालून फटोवप; (कोण आशिल्ल्याचो) आव हाडप.

mass (n) मीस; इगर्जेतलें प्रवचन; प्रार्थना; □ लोळो; थापो; □ चोंबो; घोंस; पुंजो; □ मोटी संख्या; जमो; खेट; गर्दी; • **(v)** एकठावप; जमप; रास करप.• **the masses (n)** सामान्य जनता; भौस; वयल्या वर्गांतले सोडून हेर लोक; • **mass media (n)** समाचार प्रसार साधन (रेडियो, दूरदर्शन, वर्तमानपत्रां बी).

massacre (n) क्रूरतायेन, निश्ठूरपणान केल्ली कापाकापी; कत्तल; • **(v)** कापाकापी करप; चांचावन मारप.

massage (n) (घो) मसाज; मालीश; चंपी; • **(v)** मालीश करप; आंगाक तेल लावप; आंग रगडप.

massive (adj) आकांताचो; मोटो; जड गुळो; □ आंगान भरिल्लो.

mast (n) स्तंभ (बावट्याचो, घुडयेचो); म्हेड; धोलकाठी (तारवाची).

master (n) (घो) मास्टर; पात्रांव; सावकार; धनी; मालक; □ आचार्य; शिक्षक; □ जाणकार; तज्ञ; □ कपीत; □ मेस्त्री; मुखेल; □ कुमार (भुरगो); • **(v)** धनी जावप; शेक चलोवप; जाणकार जावप; तज्ञ जावप; गिन्यानी जावप.

master key (n) मुखेल चावी; □ गुरुकिल्ली.

masterly (adj) कुशळतायेचो; जाणकाराचो; बेस बरो (वैजाचो, चित्रिकाचो हात).

mastermind (n) बुदवंत मनीस; जाच्या फुडाकारान तड गाठूं येता अशी व्यक्ती; □ (बऱ्या वा वायट अर्थान) गुरु; बुद्द दिवपी; • **(v)** येवजण आंखून तडीक पावोवप.

masterpiece (n) (त्या त्या कलाकाराची) सगल्यांत बरी कलाकृती.

mastery (n) धनीपण; शेक; जाणकारी; कुशळताय; फिशालकाय.

masticate (v) चाबप; चाबून खावप; पिठो करप.

mat (n) शेंदरी; मांदरी; हांतरी; जमखान; जाजम; हातरपटो; □ (रबराचें, काथ्याचें बी) पांयपुसणें; □ मेजार बी पातळायिल्लें विणकाम; □ जळारां, किमसां धांवडावचेली कापटी.

matador (n) बैलझुजारी; बैलाकडेन झूजून ताका जितो मारपी मनीस (एक खेळ); □ मोटारीचो एक प्रकार.

match (n) सांगाती; वांगडी; भागी; जोडीदार; □ सर्त; दाव; खेळ; □ लग्न; □ घोव वा बायल; • **(v)** जुळोवन लग्न करप, जावप; सांगाती सोदून काडप; □ सर करप; तुळा करप; • **matchmaker (n)** लग्न जुळोवपी; रायबारी; मदेस्त; • **matching (adj)** जुळटो.

matchbox (n) फस्क.

mate (n) नर वा मादी; घोव वा बायल; जोड्यांतली एक व्यक्ती वा प्राणी; सांगाती; • **(v)** एक जावप; लग्नाचो एकवट घडप; • **mating (n)** समागम.

material (n) जिनस; म्हाल; सामान; □ लुगट; • **(adj)** संवसारीक, ऐहिक; भौतिक; □ म्हत्वाचो; हिसबाक धरपाचो.

materialize (v) फळादीक जावप; उत्पन्न करप; रूप घेवप; प्रत्यक्षांत येवप.

maternal (adj) आवयचो; आवयभाशेन; नात्यान आवयवटेनचो; आवयच्या वर्गणांतलो; • **maternal home** (n) आजोळ; • **maternity** (n) मातृत्व; आवयपण.

mathematics (n) गणीतशास्त्र; • **mathematician** (n) गणीतशास्त्रज्ञ; गणिती.

matinee (n) दनपारा उपरांतचो नाटकाचो, सिनेमाचो वी खेळ.

matriarchal (adj) मातृसत्ताक.

matriculate (adj) मॅट्रीक पास जाल्ली (व्यक्ती).

matrimonial (adj) लग्नाचो; लग्नासंबंदीत; • **matrimony** (n) लग्न; लग्नसंस्कार; लग्नाचें जिवीत; दांपत्य जीवन.

matrix (n) सांचो; मूस; आयट.

matron (n) सुसंस्कृत बायलमनीस; □ हॉस्पिटलांतल्या नर्सींची वरिश्ट; □ हॉस्टेलाची वेवस्थापिका.

matted (adj) (वेतान वी) विणिल्लो; □ (केंसांच्या) जटांचो; □ चकचकना असो; फिकट.

matter (n) पदार्थ; जिनस; वस्त; □ बरप; मजकूर; □ चर्चेचो वा भासाभाशेचो विशय; □ (घायांतलो) पूं; □ सामान; □ खबर; घडणूक; प्रकरण; □ म्हत्व; कारण; • (v) म्हत्व मानप; म्हत्वाचो जावप.

matting (n) शेंदऱ्यो, हातर वी जाचे करतात तें वेत वी.

mattock (n) कुदळ; पिकास; कोंचण.

mattress (n) गादी; कुलच्यांव.

mature (adj) कूड आनी मन हांचो पुराय विकास जाला असो; प्रौढ; परिपक्व; जून; पिको; (हप्तो वी) जाची मुजत भल्ल्या असो; • (v) पुराय विकास जावप; पिकप; (हप्त्याची) मुजत भरप; • **maturity** (n) शाणपण; परिपक्वताय; • **maturate** (v) (फोड, पुळी वी) पिकप; • **maturation** (n) पिकिल्ली अवस्था; पक्वताय.

maudlin (adj) (सोऱ्यान) घुंवळ्ळेलो; सोरो पियेवन आकूळ-पिकूळ जाल्लो; रडूंक पावला असो.

maul (n) घण; • (v) मारप; फापसप; टिका करून बदनाम करप.

maund (n) मण (वजन).

maunder (v) चकाटां मारप; हेडप.

mausoleum (n) थडें; थड्यावयलें यादस्तीक.

mauve (n) वांयग्यां रंग; जांबळो रंग.

maverick (n) स्वतंत्र वृत्तीचो मनीस; सवळें भश्ट जाका लागना असो; □ वाऱ्यार भोंवपी बैल (दागूंक नाशिल्लो); बांगर बैल.

maw (n) (जनावराचो) कोठो.

mawkish (adj) दुर्बळ; गळगळो.

maxim (n) ओपार; म्हण; जाणट्यांली सांगणी.

maximum (adj) चडांत चड.

May (n) मे; क्रिस्ती वर्साचो पाचवो म्हयनो; • **may** (n) शक्य जावप.

mayhem (n) हिंसा वा मारामारेक लागून इबाडिल्लें वातावरण.

mayonnaise (n) एके तरेचें लोणचें (सॉस).

mayor (n) (घो) मेयर; नगराध्यक्ष; महापौर.

mazarine (n) गाड निळो रंग.

mazy (adj) घुसपणेचो; गोंदळांत घालपी; गटखळ.

meadow (n) चरवाचें मळ.

meagre (adj) हाडकुटो; किडकिडीत; □ सामको उणो; पावना असो.

meal (n) जेवण; □ रवो; कणो; पीठ.

mean (adj) काटूक; चामटो; □ मदलो; मध्यम; □ सरासरीचो; □ उणाक; हलकट; □ बुरसो; हळशिकावणो; □ सकयल्ल्या पांवड्याचो; • **(v)** अर्थ काडप; अर्थ जावप; हेतू, इरादो आसप; म्हत्व दवरप; मनांत आसप; • **meaning (n)** अर्थ; सार; हेतू; तात्पर्य; कारण.

meander (v) वांकडें-तिकडें वचप; हांगा-थंय हेडप; (न्हंयचें) मोडणामोडणांनी वचप.

means (n) साधन; उपाय; □ येणावळ; जोड; आस्पत.

measles (n) उरडें.

measure (n) जोख; माप; लांबाय-रुंदाय-उंचाय-दाटाय; प्रमाण; मात्रा; □ मर्याद; शीम; □ कारवाय; उपाय; • **(v)** मापप; मेजप; जोखप; आंखप; मोलावप; (बळाचो) अदमास घेवप; तुळा करप; • **measurement (n)** मापणी; मेजणी; जोखणी.

meat (n) मांस (खाण); (फळाचो) गरोप.

mechanic (n) (घो) मॅकानीक; मेस्त्री; यंत्रज्ञ; यंत्र सारकें करपी; यंत्राची जतनाय घेवपी; • **mechanical (adj)** यंत्रासंबंदीत; (करणी) यंत्राभाशेन; • **mechanics (n)** गतीशास्त्र; यंत्रशास्त्र; • **mechanism (n)** यंत्रणा; यंत्ररचना; तंत्र; घडण; • **mechanization (n)** यंत्रीकरण.

medal (n) (घो) मॅडल; पदक.

meddle (v) जायण्यो करप; उचापती, राटावळी करप; चोबाळण्यो करप, धवळ घालप; दुसऱ्याच्या वेव्हारांत नाक घालप; • **meddler (n)** ढवढाळी व्यक्ती; धवळो; बेकार थवय.

media (n) खबरो दिवपी यंत्रणा; प्रचार माध्यम.

media(e)val (adj) मदल्या युगांतलो, काळांतलो.

mediate (v) मदेस्ती करप; मर्दी पडून तंटो सोडोवप; • **mediator (n)** मदेस्त; पंच; समजिकाय घडोवन हाडपी; • **mediation (n)** मदेस्ती.

medical (n) वैजकी तपासणी; • **(adj)** भलायकी निवळपासंबंदीत; वखदांसंबंदीत; वैजकेसंबंदीत; • **medical leave (n)** भलायके संबंदीत रजा; • **medicament (n)** वखद (पोटांत घेवपाचें वा कातीक लावपाचें); • **medicine (n)** वैजकी विद्या; भलायके-शास्त्र; वैजकी; □ पोटांत घेवपाचें वखद; • **medico (n)** वैजकी विद्यार्थी; वैज.

medicate (v) वखद दिवप; वखद घालप.

mediocre (adj) सुमार; सुमाराचो; सामान्य; बरो वा वायटूय न्हय असो.

meditate (v) ध्यान करप; मनन, चिंतन करप; खोल विचार, नियाळ करप; • **meditation (n)** चिंतन; मनन; ध्यान; साधना.

Mediterranian Sea (n) भूमध्यसागर.

medium (n) उपाय; साधन; माध्यम; • **(adj)** मध्यम.

medley (n) तरेकवार वस्तूंची भरस; खिचडी; खतखतें; तरेकवार लोकांचो मेळ; विविधा; पंचभरस; सरभरस.

meek (adj) नम्र; नमळायेचो; भोळो-बाबडो; सादो-भावार्थी; सोंसणिकायेचो.

meet (v) मेळप; भेटप; एकठांय जमप; एकामेकांक जोडप; समाधान करप; फारीक

करप; • (n) बसका; सभा; • **meeting** (n) सभा; संमेलन, परिशद; भेट; बसका; □ संगम.

megalomania (n) आपूण कोण खूब मोटा हे भावनेन ग्रासपी मानसिक पिडा; कितें तरी आकांतावें करपाची कूय.

megaphone (n) (घो) मेगाफोन; आवाज व्हड करपाचो कोरनो.

melancholy (n) खंती गबपाचो सभाव; चित्तास गुल्न जाल्ले भागेन गबपाची आतिकाय; उमेद नासप; • (adj) खंती; उदास; मनास पडिल्लो, उमेद नासिल्लो; (खबर) उदास करपी.

melee (n) लटापट; मारामारी; चावाळ.

meliorate (v) सुधारप; बरें जावप.

mellifluous (adj) गोड उल्पांनी, जाचे जिबे मजा घेवंदर अशी; म्हूंचे उल्पांनी; □ म्होंवो; मधूर; गोड.

mellow (adj) (फळ) पिकें; गोड; मायळ; (सभाव) समंजसायनी; प्रमत्र; मोवाळ, (ग) आवाज, उजवाड बी) धंड; शांत; □ (भूंय) पिकाळ; • (v) मोव करप; मोव जावप; (फळ) पिकोवप; पिकप; (सभाव) मोवाळ करप; जावप.

melodrama (n) कल्पनाधारी, दोळ्यांत दुकां वी हाडपी अशी भिमाणे बरो शेवट दिवपी नाटक; अंतिमाय दुकांतली नाटक, गोड; नाटकी भास वा करणी; अती करणी.

melody (n) मधूर संगीत; गोड सूर; आवाजाची गोडसाण; लय; तान; • **melodious** (adj) कानाक गोड लागपी; गोड चालीचें (पद).

melon (n) काळींग; चिबूड; मोगें.

melt (v) इवसाणीन करप; कडोवप; पातळ जावप; विरगळप; द्रिरप; पाजप.

member (n) सांगाती; वांगडी; सदस्य; सभासद; घटक; सांदो; • **member of the family** (n) कुटुंबाचो घटक; घराव्याचो वांगडी; • **member of class** (n) वर्गी; • **membership** (n) सभासदत्व; सदस्यत्व; वांगडीपण; □ वांगडी-पटी; सभासद वर्गणी; • **Member of Parliament** (n) संसद सदस्य; संसदेचो वांगडी.

membrane (n) पातळ पडडो; पचकटो; आवरण.

memento (n) (व्यक्ती वा प्रसंगाचे) यादस्तीक; निशाणी; स्मारक; उगडास-वस्त; गबन.

memo (n) memorandum चो संक्षेप; • **memorandum** (n) निवेदन; □ टांचण; स्मरण-पत्र.

memoir (n) लेखकान बगोवन कार्डिल्ले उगडास; अणभोवल्ल्या, पळवल्ल्या प्रसंगाचे वर्णन; • **memoirs** (n) चरित्र; आत्मचरित्र; □ संशोधन निबंद.

memorable (adj) यादींत दवरपासारको, उमाको; उगडासांत रावपाक योग्य.

memorial (n) यादस्तीक; स्मारक.

memorialize (v) उगडास मनोवप.

memory (n) उगडास; स्मृती; स्मरण-शक्त; याद; मनींत दवरपाचो ताक; • **memorize** (v) मनींत घट दवरप; पाठ करप; उजळणी करप.

menace (n) संकश्ट; धोको; धमकावणी; भेशटावणी; धेंक; □ जाम दिवपी मनीस वा वस्त; • (v) धेंक घालप; भंय घालप; धमकावप.

menagerie (n) रानसावदां सांबाळपाचें सुवात (सर्कशीतली बी); प्राणीसंग्रह.

mend (v) (पिंजल्लें, मोडिल्लें) सरी करप; सारके करप; जाग्यार हाडप (भलायकी बी) निवळावप; □ निगूत करप.

mendacious (adj) फटी मारपी; तड्डकी; असत्यान चलपी; • **mendacity (n)** असत्यपण; तड्डक.

mendicant (n) भीक मागपी; भिकारी; भीक मागून पोट भरपी.

menfolk (n) घराब्यांतले दादले.

menial (adj) गुलामान, बंद्यान करचेलो (वावर); घरांतलो (वावर); • **(n)** घरांतलो चाकरमानो; घरांत काम करूंक दवरलेली व्यक्ती.

meningitis (n) मेंदवाच्या वा फाटी-कण्याच्या पचकट्याक आयिल्ली सूज आनी तिका लागून जावपी दूख.

mensurable (adj) मेजूंक मापूंक जाता असो; थारायिल्ल्यो शिमो आशिल्लो.

menswear (n) दादल्यांचो भेस.

mental (adj) मनाचो, मतीचो; मानसीक; • **(n)** मनोरुग्ण; □ मनोरुग्णांचें हॉस्पिटल; • **mentality (n)** सभावगूण; बड; मनोवृत्ती.

menthol (n) (घो) मँथोल; एक खर वासाचो अर्क (थंडी भारकुणेक वखद म्हणून वापरतात).

mentor (n) विस्वासू, अणभवी सल्लागार; मार्गदर्शक; बरो उपदेस करपी; गुरु.

menu (n) (हॉटेलांत) जेवणा-खाणाच्या जिनसांची वळेरी.

mercantile (adj) व्यापार-धंद्यासंबंदीत; व्यापारी.

mercenary (adj) दुडवांक संवकल्लो; भाड्याक वावुरपी; • **(n)** दुसऱ्या देशांत भाड्याक वावुरपी सैनीक; भाडोत्री सैनीक.

mercerize (v) रेशमा भाशेन दिसचें म्हणून (सुती कापडाचेर) प्रक्रिया करप.

merchandise (n) किऱ्या-विकऱ्याचो म्हाल; व्यापारी जिनस.

merchant (n) व्यापारी; • **merchant navy (n)** व्यापारी तारवां.

Mercury (n) बुध; • **mercury (n)** पारज; पारो; • **mercurial (adj)** पाऱ्याचो; □ उमेदी, हजरजबाबी.

mercy (n) काकूट; दया; चुरको; कृपा; कुर्पा; • **merciful (adj)** दयाळ; कृपाळ; चुरको करपी; उदार; • **merciless (adj)** निश्ठूर; दयामाया नाशिल्लो; • **mercy killing (n)** वळवळ्यांतल्यान वाटावंक (इंजेक्शन बी दिवन) मरण फावो करप; सुखमृत्यू.

mere (adj) फकत, मात्र; • **mere right (n)** नांवापुरतो अधिकार.

meretricious (adj) (वस्ती) फकत भायल्यान दिसूंक सोबीत; झकपक; □ (साहित्य) फकत अळंकारीक उतरांनी भरिल्लें.

merge (v) विलीन करप; विलीन जावप; सामील जावप; □ विरगळून, खिरून, विरून वचप; □ विलीन जावन एक जावप; • **merger (n)** विलय; विलिनिकरण; एक जावपाची क्रिया.

meridian (n) सूर्य वा खंयच्याय नक्षत्राचो ऊंचांत ऊंच पावपाचो बिंदू; □ तेमूक; तेंगशी; कळस; **(adj)** मद्यानेचो; मद्यानेवेळेचो; • **meridian hour (n)** मद्यान; मध्यान्ह.

meringue (n) तांतयांतलो धवो बोळ भरसून केल्लो केक वा मिठाई.

merino (n) बरी लां दिवपी मेंढ्याची एक जात; असल्या लांपासून केल्लें लुगट.

merit (n) पात्रताय; योग्यताय; लायकी; ऊंच पांवडो; गूण; बरेपण; खुबी; खाशेलकाय; • **(v)** (इनामाखातीर, ख्यास्तीखातीर बी) पात्र जावप; फावप; • **merit list (n)** योग्यतायेक धरून वळेरी;

पात्रतायेचो पांवडो; • **the merits (n)** गुणदोश; • **meritorious (adj)** तोखणायेचो; गुणांचो; जाची तुस्त करूंक फावो वा जाका इनाम फावो असो.

mermaid (n) जलपरी; मत्स्यकन्या; दर्यासुंदरी; बायलेच्या रुपाचें नुस्तें (कल्पीत).

merry (adj) खुशाल; खोसभरीत; धादोशी; मौजमजेचो; • **merriment (n)** मौजमजा; आनंद.

mesh (n) जाळें; जाळयेचो बुराक; □ (अनेक वचन) जाळ; जाळाचे धागे; • **(v)** जाळांत धरप; □ दांतरे एकामेकांत चप्प बसप.

mesmerize (v) भूल घालप; सुदबुद विसरायेर घालप; सयराणा भायर वरप; □ गुल्ल करप.

mess (v) (वस्तू) इबाडप; घाण करप; म्हेळी करप; □ (काम) इबाडप; □ गडबड घोटाळो करप; □ हेडप; बेकार भोंवप; □ एकेच सुवातेर जेवण करप; • **(n)** ताटली; बशी; □ सुण्याचें जेवण; □ वेगळ्या वेगळ्या पदार्थांची भरस; खिचडी; □ बजबज; घुमपागोंदळ; □ खानावळ; एकेच सुवातेर जेवण घेवपी लोक (सैनीक, विद्यार्थी वी); जेवण; □ चिखल; नर्क.

message (n) संदेश; निरोप; कळवणी; रुकाद; सागणी; • **messenger (n)** सांगणी पावोवपी; पायक; संदेशक.

Messiah (n) ज्यू लोकाक कश्टमुक्त करूंक येवपी राजा; सोडवणदार; जेजू.

metabolism (n) प्राणी जें अन्न घेता तातें जीवनद्रव्यांत रुपांतर.

metal (n) धातू (भांगर, तांबें, लोखण वी); □ मार्गार घालतात ती खडी; □ आगगाडयेचे रूळ; • **made of five metals (adj)** पंचलवों (मुर्ती); • **Metal Age (n)** धातुयूग.

metallurgy (n) मीन जमनींत सोदपाचो, काडपाची वी विद्या; मीन काडले उपरांत तातेर प्रक्रिया करपाचें शास्त्र.

metaphor (n) रुपक (पत: रागाक तो वाग).

metaphysics (n) तत्वमिमांसा; तत्वगिन्यान; □ अध्यात्मविद्या.

mete (n) शीम; शिमेफातर; • **(v)** (नीत) तर्जुन दिवप; (ह्यास्त) फावो करप.

meteor (n) मळबांतल्यान खाला पडिल्लेभाशेन दिसता तो उजवाड-गुळो; उल्का.

meter (n) (घो) मीटर; उदक, गॅस, वीज वी मेजपाचें यंत्र; मापक.

method (n) पद्धत; रीत; नेम; मांडावळ; • **methodical (adj)** रितीचो, मांडावळीचो; वेवस्थीत; □ रितीन काम करपी (व्यक्ती); • **methodology (n)** काम करपाची रीत; जबाबदारीचो वावर; मांडावळीन करपाची पद्धत; □ कार्य करपाचें शास्त्र; • **methodist (n)** पद्धत पाळटा तो.

meticulous (adj) बारिकसाणेचो; लहान लहान गजालींचेर लक्ष दवरपी; सामको चत्रायेन रावपी; सादूर.

metier (n) जण एकल्याचो धंदो; वेवसाय वा कार्यक्षेत्र; विशेशताय; खाशेलपण.

metre (n) मीटर; लांबाय मेजपाचें मुखेल मेट्रीक माप (= 39.37 इंच); □ काव्यांतलो छंद; वृत्त; • **metric system (n)** दशमान प्रणाली (हातूंत मीटर, लीटर, किलोग्राम हीं मापां आसपावतात).

metrology (n) मापशास्त्र.

metropolis (n) महानगर; राजधानी; राजपाटण; मोठ्या उलाढालींचें शार.

mettle (n) सभावगूण; योग्यताय; तांक; बळगें; कपशी; धिटाय; उमेद; नेट; नाद.

mew (n) कोकादर; पाणकोंबो; □ पांदरो;

□ माजरा-पिलाचें 'म्यांव-म्यांव'; • (v) पांदऱ्यांत घालप; □ म्यांव-म्यांव करप.

mews (n) एकेकाळची घोडवळ, आतां चाळ.

mezzanine (n) पोटमाळो; तळमाळो आनी पयलो माळो हांचेमदली पोटमाळी.

miasma (n) वायटाक पडपी हवा; प्रदुशीत वायू.

mica (n) अभ्रक.

mice (n) हुंदीर (अनेकवचन).

micro (prefix) सामको ल्हान; सुक्षीम; □ एक दशलक्षावो भाग.

microbe (n) (घो) मिक्रोब; अणुजीव; दोळ्यांक दिसना तसलो सामको बारीक जीव; सुक्षीम जंतू.

microbiology (n) अणुजीवशास्त्र.

micrometer (n) सुक्षीम अंतर मेजपाचें उपकरण.

micron (n) मीटराचो दशलक्षावो वांटो.

microphone (n) (घो) मायक्रोफोन; आवाज ओडून घेवन व्हडान पातळावपी उपकरण.

microscope (n) (घो) मायक्रोस्कोप; सुक्षीमदर्शक; • **microscopic** (adj) सामको ल्हान (जो मायक्रोस्कोपाबगर दिसना).

microwave (n) लघुतरंग (जाचो रडाराचेर परिणाम जाता).

mid (adj) मध्य; मदलो; • (n) मदेक; • **mid-term election** (n) मदीं घेवची पडिल्ली वेंचणूक.

Midas (n) हात लायता ताचें भांगर जातलें असो वर प्राप्त जाल्लो राजा (ग्रीक); • **Midas Touch** (n) सूख दिवपी पोशेणी; मायेचो हात.

midday (n) दनपारचो वेळ; बारा वरांचो कड.

midden (n) उश्टेवारो.

middle (n) मदलो भाग; मध्यबिंदू; • **middle aged** (adj) जुवानपण आनी म्हातारपण हांचेमदलो काळ; □ आडसाटो; • **the Middle Ages** (n) रोमन साम्राज्याचो अंत आनी रिनासांस हांचे मदलो काळ; • **middle class** (n) मध्यम वर्ग; • **the Middle East** (n) मध्यपूर्वेंतले देश; • **middleman** (n) मदेस्त; रायबारी; व्यापारी दलाल; ठोक वेपारी.

midge (n) किमस; हुलूक.

midget (n) गिड्डो, मोटवो मनीस.

midnight (n) मद्यान; रातीचो बारांचो पार.

midst (n) मदली सुवात; मध्यभाग.

midstream (n) उदकाचो मदलो झोत.

midway (adv) अर्दे वाटेर; वाटेर मदीं.

midwife (n) वैजीण (बांयटेर काडपी); • **midwifery** (n) वैजीणशास्त्र.

mien (n) नुर; रूप; चेरो; मनस्थिती.

might (n) बळगें; तांक; शक्त; • (v) जायत, आसत बी अर्थाचें may क्रियापदाचें रूप; **mighty** (adj) बळिश्ट; व्हड तांकीचो.

migraine (n) शिसल, तकली, कपल उसळप.

migrate (v) दुसऱ्या देसांत रावतिका करप; परदेसांत रावंक वचप; □ पक्षी, जनावरांनी रुतूबदलाप्रमाण दुसरेकडेन रावंक वचप; • **migrant** (n) कांय काळाखातीर दुसऱ्या प्रदेशांत वा देशांत रावपी व्यक्ती, प्राणी बी; • **migration** (n) स्थलांतरण; देशांतरण.

mike (n) (घो) मायक; **microphone** चो संक्षेप; • (v) कामचोरपण करप; काम करिनासतना रावप.

milage, mileage (n) मैलाच्या हिसाबात केल्ली मेजणी; मैलानी हुंपल्लें अंतर; • **mile** (n) मैल (लांबाय मेजपाचें माप) = 1.6093 किलोमीटर; • **milestone** (n) मैलाची फातर; □ म्हत्वाची घडणी.

milch (adj) दूद दिवपी (जनावर); • **milch cow** (n) दूद दिवपी गाय; □ नेमान येणावळ दिवपी साधन.

mild (adj) (मनीस) सभावान मोवाळ; धंड; शांत; दयाळ; नम्र; □ (नेम) नरम (कडक नय अशें), (खाप्पत) कडक नय अशी; □ कितेंय जें खर नय अशें; तेव.

mildew (n) बुरो; बुरशी; चितो; • (v) चितेवप; बुरो येवप.

milieu (n) भोंवतणचें वातावरण; परिसर; आसमंत; □ सामाजिक परिसरणी

militancy (n) झुजपी वृत्ती; लढपाची वृत्त; झुजपी मेळीपणाचो सुभावगुण; • **militant** (adj) झुजत घुसपल्लो, आतंकवादी; उग्रवादी.

military (n) लस्कर, फौज, सैन्य, सेना, • (adj) लस्कर वा झुज हांगेसंबंदी • **military pact** (n) लस्करी करार.

militia (n) नागरीक सेना, (राजेशाहीतल्या) पालवी सेना.

milk (n) दूद; नात्सांचो वा कांय वनस्पतींचो रोस; • (v) दूद काडप; • **coagulated milk** (n) नासोवंचें; • **milkmaid** (n) दुदाचो वेवसाव करपी बायलमनीस, गवळण; • **milkman** (n) दुदाचो वेवसाय करपी रवडलो, गवळी; • **milk-tooth** (n) दुदाचो दांत; भुगाक पयलेंच खंय अशिल्लो दांत, • **milky** (adj) दुदाळ; दुदाचो; दुदसणचो

Milky Way (n) आकाशगंगा; मळबात जीं पातळ्ळेलीं नक्षत्रां लुकलुकतात तीं.

mill (n) पिठाची गिरण; दातें; □ (कापड, लुगट, कागदाची वी) गिरण; • (v) दळप; एकेच सुवातेर गर्दी करप; • **mill-hand** (n) गिरण-कामगार; • **miller** (n) गिरणकार; गिरणीचो मालक; • **mill board** (n) पापेलांव; खड्डो; पुठ्ठो; • **millstone** (n) दांत्याची पाव; वान आनी रगडो.

millennium (n) एक हजार वर्सांचो काळ.

millet (n) बाजरी, जोंदळो वी.

milligram (n) ग्रामाचो हजारवो वांटो

million (n) धा लाख; दशलक्ष; • **millionaire** (n) लक्षाधीश; कोट्यधीश, □ दुडवांकार मनीस.

millipede (n) हजार पांयांचो प्राणी (गोठाण, वागोणी वी).

mime (n) उलोवपाबदलां हावभाव करून नाटदर्शन; मूक अभिनय करपी कलाकार; • (v) मूक अभिनय करप.

mimic (v) नकलो करप; दुसऱ्याच्यो नकला करून हासोवप; • (n) विडबन; नाटक-चावकुल्यो; • **mimicry** (n) नकलो करपाची कला; सवंग.

mimosa (n) लज्जेझाड, एक वनस्पत जिका आंकुडतकूंडे लिंवी पानां आसतात.

minaret (n) मशिदीची घुमटी जिनेवरल्यान प्रार्थनेची इशारत दितात; मनोरो.

mince (v) चाचावन बारीक-बारीक कुडके करप; खिमो करप; □ पावली घालून चलप; □ भोंवतालच्यानी उलोवप.

mind (n) मन; चित; अंतस्कर्ण; बुद्द; काळीज; तकलो (मत); □ आत्मो; □ स्मरणशक्त; उगडास; □ चिंतन; विचार; इरादो; इत्सा; □ मानसीक सस्तताय; □ विचारवंत; • (v) लक्ष दवरप; उगडास

दवरप; लक्ष दिवप; लक्ष दिवन आयकप; लक्ष लावप; चिंता करप; वायट धरप; लावन घेवप; जागरूक रावप; चत्रायेन रावप; • **presence of mind (n)** प्रसंगावधान; • **absence of mind (n)** लक्ष नासप; घाळपण; • **bear in mind (v)** लक्षांत दवरप; • **to change mind (v)** विचार बदलप; • **mind one's own business (v)** आपलें काम आपणें करप; • **minded (adj)** वृत्ती बाळगुपी; इरादो बाळगुपी (देख : narrow minded (adj) संकुचीत वृत्ती बाळगुपी); • **never mind (v)** लक्षांत धरूं नाका; • **mindful (adj)** सादर; चत्राय बाळगुपी; • **mindless (adj)** पर्वा नाशिल्लो; हुसको, जबाबदारी नाशिल्लो.

mine (n) मिनाची खण; कोळशाची खण; □ सुरींग; • **(v)** खनीज, कोळसो बी काडूंक खण मारप; सुरींग लावप; • **(adj)** म्हजो; • **miner (n)** मिनाखणींत काम करपी; • **coalminer (n)** कोळशाखणींत काम करपी; • **mining (n)** खणींतलो म्हाल काडप; सुरींग लावप; **(adj)** खणीचो (धंदो).

mineral (n) खनीज; भुंयेपोंदा मेळपी पदार्थ (धातू, कोळसो, रत्नां बी); • **mineral ore (n)** मिनाखणींतलें मीन; • **mineral water (n)** झऱ्याचें आरोग्यवर्धक गूण आशिल्लें उदक; • **mineralogy (n)** धातूशास्त्र; खनीजविद्या.

Minerva (n) (रोमन पुराणांत) विद्येची देवता; □ सरस्वती.

mingle (v) भरसप; मेळ जुळोवप; वांटो घेवप.

mini (adj) ल्हान; धाकटो; • **(n)** मिनीस्कर्ट; □ ल्हान आकाराची गाडी.

miniature (adj) ल्हान; धाकटो; • **(n)** ल्हान प्रतिकृती; लघुचित्र.

minibus (n) ल्हान, धाकटी बस.

minify (v) ल्हान वा उणो करप; म्हत्व देंवोवप; • **minimum (adj)** उण्यांत उणें (हवामान); सामकें उणें; • **minimal (adj)** सामको उणो; मातसो; थोडोसो; **minimize (v)** जाता तितलो ल्हान करप; बळ उणें करप; ल्हान, उणो वा म्हत्व नाशिल्लेभाशेन भासोवप, दाखोवप.

minion (n) 'लेंगलेंग' करपी नोकर, कार्यकर्तो, वावुरपी बी; □ गुलाम.

minister (n) मंत्री; राजदूत; □ पुरयत; • **(v)** सेवा वा मजत करप; □ (वैजकी) उपचार करप; • **ministry (n)** मंत्रीमंडळ; मंत्रीसभा; □ पुरयतपण.

mink (n) पुडी रंगाचो, मोव केंसांचो एक प्राणी; हाची लोकर.

minnow (n) तळयेतलें ल्हान सावें नुसतें; खरू.

minor (adj) पिरायेन ल्हान; भुरगो; अज्ञान; कायद्यान जाणटो न्हय असो; □ (म्हत्वान, आकारान) उणो; • **minority (n)** अल्पसंख्यांक; अल्पसंख्य लोक.

minstrel (n) मध्ययुगांतलो भोंवडेकार, कवी आनी गावपी.

mint (n) (नाणीं आनी नोटी तयार करचेली) टांकसाळ; □ एक मिरमिरीत वासाची वनस्पत; पुदिना; ओट्टेलांव.

minuet (n) एक थंडसाणेन करचेलें नृत्य.

minus (prep) वजा करून; उणो करून; • **(adj)** वजा (रक्कम); न्हयकारी; • **(n)** वजा-चित्र (-); उणाव; तूट.

minuscule (adj) रोमी अक्षरमाळेचें ल्हान (अक्षर); • **(n)** लिपयेचें ल्हान रूप.

minute (n) मिनूट; वराचो साठावो वांटो; साठ सेकंड म्हळ्यार एक मिनूट; □ खीण; □ मसुदो; नोंद; टांचण; • **(adj)** सामको लहान; मातसो; किरकोळ; तुच्छ; बारिकसाणेचो; तपशिलान केल्ली (चवकशी); • **minutes (n)** बमकेचो रिपोर्ट; कार्यवृत्त; बमकेंत चलतल्या वावराची नोंद; • **minutely (adv)** बारिकसाणेन, तपशिलान.

minx (n) धीट चली; □ चंचल, तिरट्टीटी बायल.

miracle (n) अजाप; चमत्कार; नवल; विस्मीत; अद्भूत घडणूक.

mirage (n) मृगजळ; वाळवटावयलो उदकाचो भास; दोळ्याक जाल्लो भ्रम.

mire (n) रेबट; रेबकांड; चिखल; खातोण; • **(v)** रेबकोडांत मुगप; त्रासात पडप.

mirror (n) हारसो; देख; आदर्श.

mirth (n) हांसो; हाशाचो खवदळ; मौजा; फकाणां; खोशी.

misadventure (n) दुर्भाग्य; अदृश्ट; वायट नशीब; दुर्दैव; □ अपघाती मरण; अनिश्ट घडणी.

misanthrope (n) मनीसघाणो; मनशाचो दुस्वास करपी; एकमुळो गावपी.

misapply (v) वायट उपेग करप; गैरवापर करप; नश्टखर्च करप.

misapprehend (v) उतराचो चूक अर्थ घेवप; मनशाविशीं चुकीचो समज करून घेवप; चुकीचो समज जावप; गैरसमज जावप.

misappropriate (v) दुसऱ्याचे पयशे ताका मागिनासतना वापरप; पयशांची अफरातफर करप; पयशे वायट कामाक लावप (वीद भागोवंक बी); • **misappropriation (n)** अफरातफर.

misbehave (v) असभ्य वर्तन करप; मर्यादा सोडून वागप; मस्तेपणां करप.

misbelief (n) अंधविस्वास; चुकीचो, वांकडो समज.

miscalculate (v) अदमास वा मोख चुकप.

miscarry (v) अपेस येवप; वस्त वा कितेंय चुकून दुसरेकडेन व्हरप, पावोवप, पावप; □ पोटचें वचप; गर्भपात जावप.

miscellaneous (adj) सरभरशीचें, भरशिल्लो; पंचभरस; फुटकळ; विगड-विगड; तरेकवार; वेगळे-वेगळे प्रकार आशिल्लो.

mischance (n) दुर्दैव; दुर्भाग्य; अदृश्ट; इपत्त.

mischief (n) तीड; तंटो; कूस; आडागपण; आडकर्णी; □ भगल; खटी; □ अपाय; नुसकान; • **mischievous (adj)** आडागी, नश्टो; मस्ती; अवजाळी; वाटेक वचपी; भगलो मारपी; कूस काडपी; नुसकान करपी.

misconceive (v) चुकीची कल्पना करून घेवप; गैरसमज जावप.

misconduct (n) वायट वर्तन; आचारवाणें काम; गैरवेव्हार; □ व्यभिचार.

misconstrue (v) (आयकल्ल्याचो वा फकाणांचो बी) चूक अर्थ घेवप; (मनशाक) समजुपांत चूक करप.

miscreant (adj) दुश्ट; बदमाश; तवनास; गुंड; कितेंय करपी; जाका धरबंद ना असो.

misdeed (n) वांकडी करणी; आचारवाणें काम; पातक.

misdemeanour (n) गुन्हाव; अपराध; वायट वर्तन.

misdirect (v) चुकीची वाट दाखोवप; दिशाभूल करप; (चीट) चुकीच्या नाम्यार धाडप; चुकीची म्हायती दिवप; वायट

मार्गाक लावप; व्यापार वेव्हार कशाकसो चलोवप.

miser (n) दुडवांचे बाबतींत काटूक; हिमटो; किरपण; चामटो; पोटाक वळवळावन सांठो करपी.

miserable (adj) उदास; गरीब; खांकनवाळ; दशाहीन; दिनवाशी.

misery (n) दळदीर; दुर्दशा; अदृश्ट; विदभोग.

misfeasance (n) अधिकाराचो दुरुपेग.

misfire (v) (यत्न करुनूय) यंत्र सुरू जायना जावप; आर्माचो बी फार पेटना जावप; जाय तो परिणाम जायना जावप (विनोदाचो बी); ओम फस्स जावप; केल्लें आंगलट येवप.

misfit (adj) अपात्र; अयोग्य; नालायक; □ चप्प बसना असो (आंगार कपडो बी).

misfortune (n) दुर्दैव; दुर्भाग्य; अदृश्ट; अपसरण; अवलक्षण.

misgiving (n) दुबाव, अविस्वास; भय; धुगधूग.

misgovern (v) प्रशासन, सरकार कशायकशें बेजबाबदारपणान चलोवप; कंपनी वा कसलोय वेव्हार चूक पद्दतीन चलोवप.

misguide (v) दिशाभूल करप; वायट वाटेन व्हरप; चूक मार्गदर्शन करप.

mishandle (v) वस्त कशायकशी वापरप, हाताळप; दुसऱ्यावांगडा कशायकशें वागप; व्यक्तीकडेन चूक वेव्हार वा वर्तन करप.

mishap (n) अरिश्ट; संकश्ट; वायट घडणूक; विघ्न; अपघात.

misinform (v) चुकीची म्हायती दिवप; चूक खबर दिवप; फटोवप.

misinterpret (v) चूक अर्थ लावप, सांगप, काडप; विपर्यास करप.

misjudge (v) दुसऱ्याक समजुपांत चुकप; दुसऱ्याविशीं चूक मत करून घेवप.

mislay (v) वस्त नाका ते सुवातेर दवरप; खंयूय दवरप; सोदून मेळना अशी दवरप; शेणोवप.

mislead (v) आडमार्गाक लावप; चूक मार्गान व्हरप; धोको दिवप; फटोवप.

mismanage (v) वेव्हार कशायकसो हाताळप; कारभार कशायकसो चलोवप.

misnomer (n) चुकीचें नांव; चूक संज्ञा; उतराचो चूक अर्थान प्रयोग; चुकीचें संबोधन.

misplace (v) वस्त चूक जाग्यार दवरप; अयोग्य जाग्यार दवरप; न्हय त्या मनशाकडेन दिवप; • **misplaced confidence (n)** पातयेवंक फावना ताचेर भरवंसो; फटिंगाचेर विस्वास.

misprint (n) छापणावळींतली चूक, • **(v)** चूक छापप.

mispronounce (v) चूक उच्चार काडप; अशुद्ध उच्चारण करप.

misquote (v) दुसऱ्याचें उलोवप वा बरोवप चूक अर्थान दिवप; चूक संदर्भ दिवप.

misread (v) कशायकशें वाचप; चूक अर्थ लावप.

misrule (n) अराजक; अंदाधुंदी; गोंदळाचो कशायकसो कारभार; • **(v)** सत्ता कशायकशी वापरप; लोकाचेर सत्ता अन्यायान चलोवप.

miss (v) (मोख) चुकप; (गाडी) चुकप; (संद) वगडावप; (नेम) चुकप; पळोवंक, आयकूंक बी घाळप; टाळप; • **(n)** चूक; अपेस; □ आंकवार चली; कुमारी; □ सर्त जिखता ते सुंदरीक लायतात तें बिरूद (पत: Miss India); • **missing (adj)** शेणिल्ली वा सुवातेर नाशिल्ली (वस्त).

missal (n) (क्रिस्तांवांचो) मिसाचो,

प्रार्थनेचो ग्रंथ.

missile (n) शेवटून मारपाची वस्त; अस्त्र (यंत्रातल्यान सोडपाचें); प्रक्षेपणास्त्र; क्षेपणास्त्र.

mission (n) (घो) मीशन; जीवनकार्य; ध्येय; मोख; □ शिष्टमंडळ; प्रचारक मंडळ; □ राजकी वा दुसरें कसलेंय महत्वाचें काम; ह्या कामार धाडिल्ली व्यक्ती वा पंगड; • **missionary** (n) (घो) मिशनरी; मीशन मानून वावर करपी; जिवितकार्य मानून त्या कामापासत वावुरपी; धर्मप्रचारक; कार्यप्रचारक; • **missionary spirit** (n) निसुवार्थी सेवा करपाची वृत्ती, सेवाभाव.

missive (n) सरकारी खलितो; गंभीर व्हडलें कागद (पत्र).

misspell (v) अशुद्ध बरोवप; शुद्धलेखनांत चूक करप.

misspend (v) दुडु कशाकसो मोडप; नश्टखर्च करप; विद्वाट करप.

mist (n) दव, धुकें, □ दमळ, सावट; • (v) अंधूक, अस्पश्ट जावप.

mistake (n) चूक; येवजिनासतना केल्ली गजाल; जे बरोबर न्हय तें; • (v) चूक अर्थ घेवप; चूक करप; घाळप.

mister (n) (संक्षेप: Mr.); कोणाय दादल्याक लेखून लावपाचें उतर; श्रीयुत; महाशय; महोदय; बाब.

mistime (v) अवेळार करप वा उलोवप.

mistranslate (v) अशुद्ध अणकार करप.

mistreat (v) बायट वागणूक दिवप; पिडप; सतावप.

mistress (n) (संक्षेप Mrs.); लग्न जाल्ले बायलेक कुळनाव वा उपनावापयली लावपाचें उतर; □ धनीण; मालकीण; घरकान्न, □ शिक्षिका; □ जी परिस्थितीक तोंड दिवंक शकता अशी; जी निर्णय घेवक शकता अशी; □ प्रेयसी; प्रिया; □ दवरलेली बायल.

mistrust (v) दुबावप; पातयेना जावप; अविस्वास दवरप, दिसप; • (n) दुबाव; अविस्वास.

misunderstand (v) चुकीची समजिकाय घेवप; गैरसमज करून घेवप.

misuse (v) चुकीचो वापर करप; गैरवापर करप; • (n) गैरवापर.

mitigate (v) खरसाण उणी करप; (राग इल्लो इल्लो) देंवोवप; थंडावप.

mix (v) मेळोवप; भरसप; कलसप; • (n) भरस; मिश्रण; खिचडी; • **mixer** (n) मिश्रण करपाचें उपकरण; • **good mixer** (n) लोकांत रमपी मनीस; • **mixture** (n) मिश्रण; खिचडी, (डॉक्टराच्या रेसेताप्रमाण दवाखान्यांत करून घेतिल्लें) मिश्रण; मिक्स्चर.

moan (v) पिरगप; दुखीन आवय-आवय करप, परवप; विकळापप; शिणप; • (n) पिरगण; शीण; विकळाप; □ वाऱ्याचो ल्हवू (रडकुळोसो) आवाज.

moat (n) किल्ल्या भोंवतणी आशिल्लो खंदक (चड करून उदकान भरिल्लो).

mob (n) (शिस्त नाशिल्लो) लोकाचो जमो; खेट; झुंड; लूट; कलकलाट करतल्याची गर्दी; जय बुदूद चलना असो लोकाचो मेळ; • (v) लोकान विचार करिनासतना कोणाकूय गुन्यावगार धरून रेवाडो घालप; गर्दी करप.

mobile (adj) हालोवं-धोलोवं येता असो; एके सुवातेवयल्यान दुसरेकडेन व्हरूं येता असो; भोंवतो (गाडो); फिरतो; □ (मुद्रा) जाय तशी बदलूंक येता अशी; • **mobility** (n) गतीशीलता; हालोवं येता, धोलोवं येता अशी स्थिती; • **mobilization** (n) साधन-संग्रह; सैनिकरण; • **mobilize**

(v) दुडू उद्देग धंद्याक उबो करप; दुडू घोळटो दवरप; □ झुजापासत फौज मांडावळीन तयार दवरप.

mobocracy (n) जंय कोण कोणाक विचारना, जंय कायदो चलना अशें अन्नाड्यांचें राज्य; झुंडशाय; च्यावच्याव राज्य.

mobster (n) लुटमाऱ्यांच्या पंगडाचो वांगडी.

moccasin (n) मेरवाच्या लुसलुशीत चामाचें पांयतण.

mock (adj) नकली; बनावट; फकाणांचो; दाखोवपापुरतो; • (v) फकाणां करप; भगलो मारप; नकलो करप; □ तिडावप; □ अपमान करप; • **mock battle** (n) नकली झूज; झुजाची येसाय; • **mock court** (n) प्रतिरूप न्यायालय; • **mockery** (n) फकाणां; भगलो; चेश्टायो; खेबडायो.

modality (n) वापरपाची तरा वा पद्दत; वावर करपाची तरा.

mode (n) तरा; पद्दत; नेम; मार्ग; रीत-रवीस; चाल; फॅशन; • **mode of life** (n) जिणे-रीत; जीवनपद्दत; • **modish** (adj) झकपक; फॅशनी करपी.

model (n) (घो) मॉडेल; तशा तशी दुसरी वस्त; नमुनो; प्रतीकृती; मुर्ती; □ आदर्श; देख; • (adj) देख घेवपासारको; आदर्श; • (v) नमुनो घडोवप; मॉडेल करप; □ मॉडेल म्हणून चित्रिकाफुड्यांत वसप वा शो-रुमांत रावप.

moderate (adj) अतिताय करिना असो; मयदिंत रावपी; वर्तनान सौम्य; चड वा उणो न्हय, व्हड वा धाकटो न्हय असो; मध्यम; साधारण; मध्यम-मार्गी; मोवाळ; • **moderation** (n) संयम; मयदिभितर रावप; □ मदेस्तावें काम; नियमन; शेकापोंदा दवरप; हाताभायर वचचें ना हाची घेतिल्ली जतनाय; सभेंत मर्यादाभंग जावचो ना हाचेर दवरलेलें लक्ष; • **moderator** (n) मदेस्त; बसका वा सभा नेमांभितर चलची म्हण संचालन करपी व्यक्ती; □ प्रस्नपत्रिका तपासतना कडक धोरण दवरना असो तपासनीस.

modern (adj) हालींचो; आधुनिक; अर्विल्लो; ह्या काळचो; नवो; चालंत; • **modernise** (v) आधुनिक करप; नवे चालीक धरून करप.

modest (adj) नम्र; नमळायेचो; माणसुकेचो; निगर्वी; थोडेंच उलोवपी; भिडेस्त; मुरवतीचो; ल्हानविकायेन चलपी; □ उणो; थोडो; साधारण; • **modesty** (n) विनय; भिडा; निराभिमान; □ शालीनपण; □ उणेपण; ल्हानविकाय.

modicum (n) कूस; ल्हान प्रमाण.

modify (v) (इल्लोसो) बदल करप; चड-उणो करप; (कूसभर बदल करूंक) नव्यान वस्तूचेर हात भोंवडावप; • **modification** (n) हय-न्हयसो बदल; इल्लेशें परिवर्तन; हांगा-थंय मातशें कातरून जाय तशें करप; रुपांतर.

modulate (v) ल्हान मोटो करून जुळोवप; जाय थंय कूसभर बदल करप; आवाज ल्हान-व्हड करप; वाद्याचो सूर लावप; ताळ-मेळ जमोवप.

module (n) कसलीय बांदावळ वा वस्तू तयार करतना वापरपाचो तयार घटक; स्वयंघटक.

modus operandi (n) काम करपाची मांडणी; (चड करून चोर, स्मगलर बी लोकाची); □ यंत्र बी कशें चलता ती पद्दत.

modus vivendi (n) एकामेकाचें पटना तरी सांगातान जियेवची पद्दत.

mofussil (adj) शाराभायलो (वाटार);

खेड्यांतलो.

moiety (n) वस्तूच्या दोन वांट्यांतलो एक; अर्धो भाग.

moist (adj) दमट; ओलसार; शेळ आशिल्लो; • **moisture** (n) दमटसाण; ओलसाण; शेळ; तेंव.

molar (n) दाड.

molasses (n) काकव; □ मळी.

mole (n) तीळ; चामखीळ; □ चिचोंदर; □ लहान धको.

molecule (n) कण; कुसकूट; □ रेणू.

molest (v) तिडावप; वाटेक वचप; बेजार करप; सतावप; त्रास दिवप; विनयभंग करप.

mollify (v) धातारप; धंद्दावप; शांत करप; पारासप.

molluse (n) तिसरी, शिनाणी, कणय वी.

molten (adj) कडयल्लो; कडिल्लो; तापोवन वितळायल्लो.

moment (n) खीण; घटका; घडी; वेळ; □ म्हत्व; • **momentary** (adj) खिणयाळो; खिणापुरतो; • **momentous** (adj) अती म्हत्वाचो.

momentum (n) गती; वेग; उफाडो; बळगें; नेट.

monarch (n) राजा वा राणी; सम्राट वा सम्राज्ञी; • **monarchy** (n) जंय राजा राज्य करता तो देश वा पद्धत; राजाशाय.

monastery (n) मठ; आश्रम; विहार.

Monday (n) सोमार.

monetary (adj) दुड्वांसंबंदीत; चलनासंबंदीत.

money (n) दुडू; पयसो; धन; दौलत; □ चलन; मुद्रा; □ संपत्ती; येरास; • **money-lender** (n) रिणाक दुडू दिवपी सावकार; • **money-market** (n) बँको बी; हुंडी बाजार; शेर बाजार; दुड्वाचो वेव्हार चलता ती सुवात; • **moneyed** (adj) दुड्वांकार.

monger (n) व्यापारी; म्हाल विकपी.

monism (n) एकसनावाद; एकत्ववाद; अद्वैतवाद; अस्तंतेचें एक तत्वज्ञान जें विश्वाचें मूळतत्व एकूच अशें सांगता.

monitor (n) वर्गाप्रमुख; वर्गाचेर नदर दवरपी विद्यार्थी; □ नोंद घेवपी अधिकारी; • (v) देखरेख करप; नोंद घेवप.

monk (n) जोगी; मठवाशी; संन्याशी; फकीर.

monkey (n) वानर; माकड; खेतें; □ उपद्व्यापी, उचापती मनीस; □ उतउतो प्राणी.

mono (adj) एक; एकलो; एकोडो.

monocle (n) एका दोळ्याचो चश्मो वा ओक्ल.

monocracy (n) एकतंत्र; एकेच व्यक्तीचो शेक.

monodrama (n) एकपात्री प्रयोग.

monogamy (n) दादल्याक एकूच बायल आनी बायलमनशेक एकूच घोव आसप.

monogram (n) (घो) मोनोग्राम; नांवांतल्या उतरांच्या पयल्या अक्षरांचें जोडचित्र.

monograph (n) निबंद; लहान प्रबंद.

monolithic (adj) अखंड (खांबो वी).

monologue (n) आप-उलोवप; स्वगत; आपणें आपणाकडेनूच उलोवप (एक नाट्य-प्रकार).

monomania (n) तकलेंत एकेच गजालीचें पिशें.

monopoly (n) मक्तेदारी; एकाधिकार; मक्तो; ठेको.

monotonous (adj) (वावर) एकेच

रेचो; तोच-तोच; उबगणेचो; वाज, कंटाळो गाडपी; (आवाज) एकाच सुराचो.

Monsignor (n) भोवमानादीक.

monsoon (n) पावशी वारें; पावशे दीस; गावसाळो.

monster (n) अक्राळविक्राळ प्राणी (कल्पीत); राकेस; दैत्य.

montane (adj) दोंगरी; पर्वतावयलो.

month (n) म्हयनो; मास; • **monthly (n)** म्हयनाळें; मासिक; • **(adj)** म्हयन्याचो; मासिक; • **(adv)** म्हयनेम्हाल.

monument (n) यादस्तीक; स्मारक; उगडासाची बांदावळ; • **monumental (adj)** आकांताचो व्हड; यादस्तीक म्हणून उरसारको; चड म्हत्वाचो.

mood (n) मनाची अवस्था; मन; मनस्थिती; मनोदशा; • **moody (adj)** कोल्ली; सभावान तापट; फडफडपी.

moon (n) चंद्र; चंद्रीम; • **to moon about (v)** हेडप; वेळ इबाडप; • **to moon over (v)** काम नाका दिसप; • **to moon away (v)** बसून वेळ वगडावप; मुसकां मारप; • **full moon (n)** पुनवेचो चंद्र; • **moonbeam (n)** चंद्रकिरण; • **moonlight (n)** चान्नें; चंद्राचो उजवाड; • **moonstone (n)** चंद्रकांत मणी; • **moonstruck (adj)** विक्षिप्त; पिसो.

moor (n) जंय गल्ल मातलां अशें पडंग मळ; □ उत्तर-अस्तंत आफ्रिकेंतली एक मुसलमान जात; • **(v)** होडें वा तारूं धक्यावयल्या खुटाक बी बांदून दवरप; • **mooring (n)** तारूं बांदचेली दोरी आनी खूट; तारूं बांदप; • **moorings (n)** तारूं बांदचेली वा नांगर सोडचेली सुवात; • **moorcock (n)** रानकोंबो; • **moorhen (n)** पाणकोंबी; कोकादर.

moot (n) वादाचो विशय; गजाली; भासाभास; • **(adj)** वाद; भासाभास करिसारको (विशय); • **(v)** प्रस्न मांडप; चर्चेखातीर घेवप; (एकादऱ्या विशयाचेर) चर्चा करप.

mop (n) भूंय वा पास्ट निवळ करूंक बडयेक बांदिल्ली सारण वा कुडको; • **(v)** पुसप; निवळ करप; □ (लेंसान तोंड, दुकां) पुसप; • **to mop up (v)** दुस्मानाच्या खांची-कोनशाक उरिल्ल्या-सुरिल्ल्या सैन्याचो झाडून विलो लावप.

mope (v) खंती जावप; उबगप; • **(n)** कांय गजाली मनाक लावन घेतिल्ली व्यक्ती.

moped (n) (घो) मॉपेड; मोटर आशिल्ली सायकल; ल्हान इंजीन आशिल्ली सायकल-मोटार.

moral (adj) नितीसंबंदीचो; नितीचो; नैतिक; उजू चलणुकेचो; • **(n)** देख; पाठ; तात्पर्य; • **morals (n)** नितीक तत्वां; नैतिक आचार; • **moralistic (adj)** नितीसंबंदीचो.

morale (n) आत्मविस्वास; मनोबळ; मनाची धिटाय; • **morality (n)** सदाचरण; उजू चलणूक.

morass (n) रेबकोंड; (जांतल्यान भायर सरप कठीण अशी) घुसपण.

moratorium (n) रिणकाराक कायद्यान मेळिल्ली मुजतवाड.

morbid (adj) पिडेंखोर; पिडारोग जाल्लो; मनान विकृत; • **morbidity (n)** विकृती; विकटाय.

mordant (adj) लागसारको; चाबकुरो; तोपता असो (उतरांचो मारो); रंग गाड करपी (जिनस).

more (adj) चड; अदीक; आनीक; परतून; • **moreover (adv)** हाचेखेरीज;

हाचेभायर; हो आनीक.

moreish (adj) खावंक गोड; अदीअदीक जाय दिसपी.

mores (n) (एकादरे जमातीच्यो) चालीरिती; लोकाचार.

morgue (n) (हॉस्पिटलांत) मर्दी दवरपाची कूड.

moribund (adj) मरणामत्र; मरणाच्या पंथाक लागिल्लो; (केन्नाय) मरत असो.

morn (n) सकाळ; • **morning (n)** सकाळ; दिसाचो आरंभ; फातोड; • **(adj)** सकाळचो.

moron (n) बाळबुद्दी मनीस; मेंदवाचो वाड जावंक नाशिल्लो मनीस.

morose (adj) खंती; उमेद नाशिल्लो; फडफडो; चिरगणो; • **moroseness (n)** मुसुर्शेवणी.

morphia, morphine (n) (घो) मॉरफीन; अफूचो अर्क.

morrow (n) फाले; फायचो दीस; मुखावयलो दीस.

morsel (n) कुडको; घांस; उंडी.

mortal (adj) जाका मरण चुकना असो; मर्त्य; मरणासुवादींतलो; नाशवत; □ प्राण घेवपी; जीव काडपी (घाय वी); □ रगताक तानेल्लो; □ प्रलयंकर (पातक); • **(n)** मनीस; जीण, प्राण आशिल्लें कितेय; • **mortal remains (n)** मेले उपरांतचे अवशेष (अस्थी वी); • **mortality (n)** मरतल्याचो आकडो; मृत्यूसंख्या.

mortar (n) चुनो, शिमोंट, रेंव, उदक हांची भरस; बांदावळीचो चुनो; □ तोफ; नाळ; • **(v)** चुनो लावप; बांदून काडप; □ नाळी-गुळो सोडप.

mortgage (n) घाण दवरलेली वस्त; • **(v)** घाण दवरप.

mortify (v) कुडीक दंडणावप; कुडीक कश्टावन तप करप; उपास-तापासांनी कूड वळवळावप; □ अपमान करप; हिणसावप; कुसकुटावप; लागसारकें उलोवप; मरणप्राय दुखव दिवप.

mortuary (adj) मरणासंबंदीत; निमाण्या विधींसंबंदीत; • **(n)** शवागार; मर्दी दवरपाची कूड (तत्पुरत्या काळाखातीर).

mosaic (n) रंगीबेरंगी हारशांच्या, फातरांच्या कुडक्यांची कंगरखीम.

mosque (n) मशीद; दर्गो.

mosquito (n) जळप; जळेर; किमम; • **mosquito curtain or net (n)** मच्छरदाणी; जळार-जाळ.

moss (n) शेळो.

most (adj) चड; भोव; अदीक; • **(pron)** चडांत चड; सगल्यात चड; • **(n)** चडांत चड संख्या वा अश; • **mostly (adv)** चड करून; अदीक करून; चडसो.

mote (n) धुल्लाकण; कुसकूट; रेणू.

moth (n) पिसोळें; दिव्याकडेन ओडून वचपी पाखो; वस्त्र खावपी किडो; □ सोबीत वस्तू भोंवतणी घिरट्यो घालपी व्यक्ती; • **moth-ball (n)** फिनेलची गुळी; नाफ्तालिनाची गुळी; कापरा-गुळी.

mother (n) आवय; मांय; माता; जननी; • **(v)** जन्म दिवप; आवयभाशेन उस्तवारी काडप; पतकर घेवप; • **mothercraft (n)** भुरग्यांक वयर काडपाची कला; • **motherhood (n)** मातृत्व; आवयपण; • **mother-in-law (n)** सासूमांय; मांय; घोवाची वा बायलेची आवय; • **motherland (n)** मायदेस; मातृभूमि; मायभूंय; • **mother tongue (n)** मायभास; आवयभास; मातृभाषा; • **motherly (adj)** आवयभाशेन; आवयसारकी.

motif (n) (कलाकृती वा साहित्यकृतीचें)

मूळ तत्त्व; गाबो; हेतू; □ गोट; झालर; □ मोटारीचेर कंपनीचें नांव वा कुरू.

motion (n) गती; चाल; वेग; हातवारे; हालचाल; हावभाव; (बसकेमुखावयलो) धाराव; प्रस्ताव; □ संकेत; इशारो; शिटकावणी; □ अर्जी; □ शौच; उदकाडेन; • **(v)** इशारो, शिटकावणी दिवप; • **motion picture (n)** सिनेमा-फिल्म; चलचित्र.

motivate (v) (कितेंय करूंक) प्रेरणा, स्फूर्त दिवप; मुखार काडप; कारण जावप; फाटबळ दिवप; • **motivation (n)** प्रेरणा; कारण; हेतू; निमित्त.

motive (n) निमित्त; कारण; हेतू; प्रेरणा; मनांतलें चिंतप.

motley (adj) रंगीबेरंगी; जिनसांवार रंगांचो; पंचभरशीचो; • **(n)** खिचडी; सरभरस; विदुशकाचो रंगीबेरंगी पोशाक.

motor (adj) गती, चाल निर्माण करपी; चलोवपी; • **(n)** गती निर्माण करपी इंजीन; मशीन; • **motor boat (n)** यंत्र-बोट (भोंवपाची); • **motor cycle (n)** सायकल-मोटार; मोटार-सायकल; • **motor vehicle (n)** मोटारगाडी; • **motorcade (n)** मोटारींची मिरवणूक; मोटारींचें पुरसांव; • **motorist (n)** मोटार चलोवपी; मोटार यात्री; • **motorize (v)** गती वाडची म्हणून उपकरणाक मोटर लावप (देख : शिवणयंत्राक मोटर लावप).

mottle (n) रंगीबेरंगी तिबे; तिब्यांचे पॅटर्न; रंगीबेरंगी लांचो कपडो; • **(v)** रंगीत तिब्यांनी सोबोवप.

motto (n) देखदिणें वचन; बोधवाक्य; ब्रीद; कित्याचेरूय कोरांतिल्लें आदर्श-वाक्य; (देख : सत्यमेव जयते).

mould (n) सांचो; मूस; □ फासकी; □ घडण; सभाव; पत; • **(v)** सांच्यांत ओतोवप; ओतकाम करप; जाय तसो आकार दिवप.

moult (v) (कात; केंस; पांखां) सोडप.

mound (n) मातये-रास; ऊंचाट; दोंगुल्ली; □ स्तूप; समाधी; थडें.

mount (n) दोंगर; पर्वत; देगण; □ यंत्राची बसका; □ चित्र दसोवपाचो पुठ्ठो; • **(v)** (माचयेर, घोड्यार, हतयाचेर बी) चडप; □ (दर) वाडप; □ हुमकळावप.

mountain (n) दोंगर; पर्वत; • **mountain base (n)** दोंगराचें मुळस; • **mountaineer (n)** पर्वत चडपांत कुशळ व्यक्ती; • **(v)** छंद म्हणून दोंगर चडप.

mourn (v) दुख्ख करप; दुख्ख परगटावप; सुतक मानप; • **mourning (n)** सुतक; सुतक-काळांत वापरपाचें काळें न्हेसण; □ काळें न्हेसून दुख्खाची परगटावणी.

mouse (n) हुंदीर; • **mouse-grey (n)** घूस; • **mouse hare (n)** सोंसो; • **mouse-hole (n)** हुंदरा-बीळ; • **mousetrap (n)** रातेर; मानस; पांदरो; • **mice (n)** (एकांपरस अदीक) हुंदीर.

moustache, mustache (n) मिशयो.

mouth (n) तोंड; मूख; □ बोंचो; बोंचकुटी; □ भुंयाराचें मूख; □ शिंगाचें, शेनायेचें मूख; □ न्हंयचें दर्याक मेळटा तें मूख; • **(v)** उतरांचो उच्चार करप; उलोवप; फुतफुतप; □ तोंडांत घालप, भरप, धरप; • **mouthful (n)** तोंडभर घांस; • **mouth organ (n)** चेरमेल; बाजो; • **mouthpiece (n)** वाद्याचो बी तोंडांत धरपाचो भाग; टेलिफोनाची उलयतात ती वाटी; □ मुखपत्र; □ प्रवक्तो.

movable (adj) जें थीर न्हय अशें; हालोवं येता अशी वस्त.

move (n) करणी; मुक्ती; (कसल्याय खेळांतली) चाल; • (v) हालप; हालोवप; चलप; भोंवप; फुडें सरप; □ (थाराव) मांडप; • **move aside** (v) कडाळप; कडसरप; • **movement** (n) हालचाल; कृती; चळवळ; आंदोलन; • **mover** (n) (थाराव) मांडपी; • **movie** (n) चलचित्र; सिनेमा; • **moving** (adj) कळवळावपी; भावना उचांबळावपी; मनार परिणाम करपी; □ चलतो; घुंवतो; भोंवतो.

mow (n) तणाची, धान्याची रास; • (v) लुवप; कातरप; □ मोठ्या प्रमाणार कापाकापी करप; दुस्मानाक कातरून उडोवप.

Mr. Mister चो संक्षेप; अनेकवचनांत Messrs.

Mrs. Mistress चो संक्षेप.

Ms. हालीं काळाक Miss वा Mrs. चे बदला हें उतर वापरतात.

much (adj) चड; खूब, भोंव; • (adv) भोंव करून; • (pron) चडशें, (इतलें, तितलें, कितलें) चड.

mucilage (n) झाडाक आसता तो चिकचिकीत पदार्थ; पांक.

muck (n) गायरेंत बी जमयतात तें शेण, उश्टे, पाल्याचे बी सारे; □ घाण; हळशीक; • **mucky** (adj) घाणयारो.

mucus (n) धरकल; शेमूड, ऑकेर बी; • **mucous** (adj) चिकट; पाकट; दाट; धरकलाभाशेन.

mud (n) रेबो; चिखल; माती; • **muddy** (adj) (रस्तो) चिखलाचो.

muddle (n) घुसपागोंदळ; घोटाळो; च्यावच्याव; • (v) घुसपावप; गोंदळ करप.

mudguard (n) (घो) मडगार्ड; चिखल उसळचो न्हय म्हणून वाहनाच्या चक्राकडेन लायिल्लो पंखो.

muezzin (n) मशिदींतल्यान बांग दिवपी मुल्ला.

muff (n) उबेपासत हातमोजो; • (v) झेल चुकप; नाटकांत काम करतना घुसपप, गोंदळप; • **muffle** (v) उबेखातीर रेवडावप; गुटलावप; पांगरूण घेवप; • **muffler** (n) (घो) मफलर.

mufti (n) युनिफॉर्म (वर्दी) वापरतल्यान घाल्लो सादो भेस.

mug (n) (घो) मग; चिक्र जें पिरी नासतना वापरतात; कानाचें कप; • (v) जीव तोडून अभ्यास करप; तोंडपाठ जावचें म्हणून घोळोवप; □ काळखात, असवडी आताक करून लुटप; • **mugger** (n) असवडी सांपडावन लुटपी.

muggy (adj) उबाळाचो; दमटसार.

mulch (n) नव्यानूच लायिल्ल्या रोंप्याक घालतात तें शेण, पालो बी भरसून केल्लें सारें; सावड.

mulct (v) ख्यास्त वा पटी म्हणून जबरीन पयशे वसूल करप.

mule (n) खेचर; गाढव; □ मूर्ख, हटी मनीस; □ सूत कातचेलें उपकरण; एके तरेची टकली; चाकी; • **mulish** (adj) हटी; कोडगो.

mull (v) साखर, मसालो बी घालून गरम करप; • **to mull over** (v) चिंतप; मनन करप.

muller (n) वान; पाटो; फातर; रगडो.

multi (prefix) चड; खूब.

multicoloured (adj) भोवरंगी; तरेकवार रंगांचो.

multifarious (adj) तरेकवार; जिनसांवार.

multilateral (adj) जायत्या तासांचो, कडांचो; जातूंत जायते पक्ष वा देश बी वांटो घेतात अशी (परिशद बी).

multilingual (adj) भोवभाशी.

multimillionaire (n) कोट्याधीश.

multiped (n) खूब पांयांचो प्राणी (गोठाण, वागोणी बी).

multiple (adj) जायत्या आंगांचो, अवयवांचो, फांट्यांचो; जायते; तेरेकवार; विविध; • **(n)** पटींनी येवपी संख्या; भाज्य.

multiplication (n) गुणाकार; • **multiply (v)** गुणप; गुणाकार करप; □ वाडप (चड जावप), वाडोवप (चड करप).

multiplicity (n) संख्येची व्हडाय; विविधताय; जिनसांवारपण.

multipurpose (adj) जायत्या कामांक उपकरता असो.

multistoried (adj) चड माळ्यांचो; चड मजल्यांची (इमारत).

mum (v) तोंड बंद दवरप; मोन्याचें सवंग घेवप; • **(int)** ओगी! चीप्! • **(adj)** तोंडांतल्यान उतर काडिना असो; मोनेपण घेतिल्लो; मट्ट; मख्ख.

mumble (v) अस्पश्ट उलोवप; फुतफुतप.

mummer (n) मूक अभिनय करपी; माचयेर मोन्या सवंग करून हांसोवपी परंपरागत कलाकार; • **mummery (n)** मूक अभिनय; हावभाव करून अभिनय करप.

mummy (n) (घो) मम्मी; आई.

mumps (n) गालगूट.

munch (v) दाडवणांनी धोळोवन खावप; रवंथ करून खावप.

mundane (adj) संवसारीक; धर्तरेवयलो; ऐहिक; लोकीक.

municipal (adj) नगरपालिकेचो; नगरपालिकेसंबंदीत; • **municipality (n)** नगरपालिका; • **municipal corporation (n)** महानगरपालिका.

munificent (adj) दानशूर; उदार.

munitions (n) दारुगुळो; फार-पेटाचें सायित्य.

mural (adj) वणटीवयलें; वणटीचें.

murder (n) खून; • **(v)** खून करप; जिवानशीं मारप; हत्या करप.

murk (n) काळोख; सावट.

murmur (n) गुणगुणप; (झऱ्याचो) झुळझुळ आवाज जावप.

murrain (n) मोनजातीक जावपी एक वशाची पिडा.

muscle (n) स्नायू; □ शक्त; बळ; • **muscle power (n)** आंगाची शक्त; बावळ्यांचें बळ; तुतनायक.

muse (v) चिंतन करप; ध्यान करप; एकाग्र जावन चित्त लावप; • **the Muses (n)** (ग्रीक) काव्य, संगीत बी कलांच्यो प्राणस्वरूप णव देवता; • **the Muse (n)** कवीक प्रेरणा दिवपी देवता (सरस्वती); (कवीची) प्रतिभा.

museum (n) (घो) म्युझियम; वस्तू संग्रहालय; अपरुपावळघर; पोरण्यो तशो अजापाच्यो, म्हत्वाच्यो वस्तू सांबाळून दवरपाचें तशें प्रदर्शनाचें घर.

mush (n) लिबलिबीत, लुगलुगीत जिनस; लगदो; □ सभावांतली गळगळसाण.

mushroom (n) अळमें; • **(v)** अळम्यांभाशेन अचकीत उत्पन्न जावप, वाड जावप.

music (n) संगीत; गोड आवाज; राग; गायन; गीत; संगीतशास्त्र; संगिताचीं साधनां; वाद्यां; वाजंत्रां; • **musical (adj)** आयकूंक गोड; • **musician (n)** संगीतकार; वाद्यां वाजोवपी; गावपी; • **musicology (n)** संगीतशास्त्र.

musk (n) कस्तुरी; कस्तुरीचो वास दिवपी वनस्पत; • **musk-deer (n)** कस्तुरी-मृग वा मेरू; • **musk-rat (n)** चिचोंदर.

musket (n) आदल्या काळाचीं आकारान लहान तुबकां (आर्मां); • **musketry (n)** बंदुको; बंदुको चलोवपाचें शिकप.

muslin (n) मलमल (लुगट).

mussel (n) शिपयांतलें नुस्तें (शिनाण्यो, तिसऱ्यो बी); कालूं.

mustard (n) सांसवां.

muster (v) हाजिरेखातीर, उपस्थिती दाखोवंक जमप; □ काळजांत धिटाय एकठावप; • **muster roll (n)** हाजिरेची नोंद-पटी (विद्यार्थ्यांची, कामगारांची बी).

mutable (adj) बदलपी; जी बदलूंक जाय अशी (नोंद बी); □ नाचगे; थीर नस्य असो; चंचल; • **mutation (n)** बदल.

mute (adj) जाका उलोवंक येना असो; मौनो; चिप्प; मस्त; मौनी; □ उलगाविरयत; किण्ण; • **(n)** जाचो उच्चार जायना अशें उतरातलें अक्षर; □ तंतुवाद्यांचो आवाज लहान करपी कलीप; • **(v)** (वाद्याचो) आवाज उणो करप; बंद करप.

mutilate (v) चांचावप; हात-पांय कातप; कुडके कुडके करप; पांगळो करप; • **mutilation (n)** चांचावणी.

mutineer (n) बड करपी फौजेतलो शिपाव; • **mutiny (n)** बंड.

mutter (v) फुतफुतप; गुणगुणप.

mutton (n) बोकडाचें वा मेढगाचें मांस.

mutual (adj) एकामेकांभितलो; परस्पराक; आपसातलो; • **mutually (adv)** एकामेकांभितर; आपसात; परस्पर.

muzzle (n) सोणकुटी; मुस्कट; दुकराभाशेन फुडें आयिल्लें तोंड; □ नाळांचें तोंड; □ जनावरान कांय खावचें नस्य म्हणून तांचें तोंड धांपूंक बांदतात ती दोरी वा सरयेची जाळी; • **(v)** जनावराचें तोंड बंद करप; □ (मनशाक) उलोवंक आडवारप, मना करप.

muzzy (adj) जाच्यान चिंतूंक जायना असो; तकली चलना असो; जाचीं तकलीं गिरगिरता असो.

myopia (n) (फकत) म्हज्यांतलें दिसप; लघुदृश्टी-दोश.

myriad (n) (काव्यांत बी) धा हजार; खूब मोटी संख्या; • **(adj)** सुमाराभायर; गणटेपेलो.

mystery (n) गूढ तत्व; गूट; रहस्य; गुपीत; गोम; भितल्ली खबर; □ कुवाडे; समजना अशी गजाल; □ दैवी गिन्यान; • **mysterious (adj)** रहस्यमय, गूढ, गुमानीत; □ जो समजना असो; □ चमत्कारी, अद्भूत; □ गजाल लिपोवन दवरपी (मनीस).

mystic (adj) गूढ; गूटांत रेवडायिल्लो; □ दैवी; मनशाचे समजणेपलो; □ करणी, जादूसंबंदीत; • **mysticism (n)** रहस्यवाद; • **mystify (v)** घुसपावप; कठीण करप; सादे गजालीचें रहस्य करप; घुसपावप.

myth (n) देव देवतांच्यो कागयो, पुराणातल्यो काणयो; कल्पित कथा; परंपरेन चलत आयिल्ल्यो कथा; □ अडेचीं कल्पना; फट; • **mythology (n)** पुराणांतल्यो कथा; जावन गेल्ल्या व्हड व्यक्तिविशीं चलत आयिल्ल्यो कथा.

N n

N n रोमी अक्षरमाळेचें चवदावें अक्षर.

nab (v) गुन्याव करतल्याक गुन्याव करतना धरप; अटक करप.

nacre (n) मोतंयाची शिपी.

nadir (n) शिरोबिंदूचे विरुद्ध दिशेचें तोंक; अधोबिंदु; □ सामकी सकयल्ली दशा; वायटांत वायट परिस्थिती; वायट परिस्थितीची अंतीम अवस्था.

nag (n) तट्टू; घोडूक; खेंचर; • **(v)** दुसऱ्याक तरे धरप; थोमणे मारप; सतावप; पिडप; दुसऱ्याची फाट घेवप; • **nagging (adj)** झगडाळ; तीड काडपी; सतावपी; दुसऱ्याची फाट घेवपी; जीव नाका करपी.

nail (n) नाखूट; नाखशी; □ खिळो; • **(v)** खिळो मारप; खिळावप, • **nail-cutter (n)** (घो) नेलकटर; नाखी; नाखटां कापचेलें ल्हान आवत.

naive (adj) मनांत कंपट नाशिल्लो; सादो-भावार्थी; सभावान सरळ; बाबडो; थोडोसो अरवळ; • **naivete (n)** सरळ सभाव; भोळेपण; अरवळपण.

naked (adj) नागडो; उकतो; विंगळो; आंगार वस्त्र नाशिल्लो; जाका आडस ना असो (दिवो).

name (n) नांव, नामना; कीर्त; लोकीक; • **(v)** नांव दवरप; नांव घेवप; नांवान उलो मारप; नेमप; • **namely (adv)** म्हणचे; म्हळ्यार; दुसऱ्या उतरांनी; • **namesake (n)** त्याच नांवाचो दुसरो मनीस; • **nameless (adj)** नांव नाशिल्लो; जाका कोण वळखना असो; अज्ञात; • **nameworthy (adj)** नांव घेवपासारको; • **name's sake (adv)** बाबीपुरतो; बाब म्हणून (करचेलो); • **naming ceremony (n)** बारसो (हिंदूंत).

nanny (n) भुरग्यांक सांबाळपी बायल; • **nanny goat (n)** बोकडी.

nap (n) (दिसाची) लकण; झेम; • **(v)** लकण येवप; झेम काडप; पाती लावप.

napalm (n) (घो) नेपाम; नाफतालीन आनी नाल्लाच्या तेलाचो मेळून केल्लो एक रोखडो जळपी पदार्थ; • **napalm bomb (n)** नेपाम बॉम.

nape (n) मानेची फाटली वट; मानेचो मणको, कांटो.

napery (n) मेजार घालपाचें, मांडपाचें सोबेचें लुगट; नॅपकीन, ल्हान तुवालो बी.

naphtha (n) खणींतल्या कोळशापासून काडटात तें पेटपी तेल; दिव्याचें पेट्रोल; जाचेपासून फिनेलाच्यो गुळयो करतात तो पदार्थ; • **naphthalene balls or moth balls (n)** नाफथालिनाच्यो गुळयो.

napkin (n) (घो) नॅपकीन; हात पुसपाचो लहान तुवालो; पातळ कागद; जेवतना मांडयेर पातळावपाचो लेंस.

narcissism (n) आपणेंच आपले तोखणायेंत गुल्ल रावप; स्वयंपुजा; हांवपण; आत्मरती.

narcotic (adj) न्हीद हाडपी, माणें लावपी, धुंदी चडोवपी (पदार्थ); • **(n)** गुंगेचें वखद; मादक पदार्थ; □ घुवळे वखदाक सवकल्लो.

narrate (v) वर्णन करप; काणी वा प्रसंग सांगप; • **narrative (n)** कथन.

narrow (adj) अशींर; अरुंद; □ (मनान) मोटवो; सकुचीत; • **narrow escape (n)** आंगळान वाटावणी; • **narrow gauge (n)** अशींर रेल्वे-लायन; • **narrow minded (n)** अशींर मनाचो.

nasal (adj) नाकामबदीत; नाकयो; अनुनासिक; • **nasal bone (n)** नाकाचे हाड.

nascent (adj) उदेतो; निकतोच जल्माक येवपी; वयर सरपी.

nasty (adj) नाका दिसपी; हळशिकावणी; □ दुवाड; जाका सांबाळप, हाताळप कठीण असो; □ (वारें) आंग कातरपी.

natal (adj) जल्माचो; जल्मामबदीत; • **natality (n)** जननप्रमाण.

nation (n) देस; राष्ट्र; राष्ट्राची जनता; • **nationhood (n)** राष्ट्र म्हणून अस्तित्व; राष्ट्रत्व; • **national (adj)** राष्ट्राचो; राष्ट्रीय; सगल्या देसाचो; • **national anthem (n)** राष्ट्रगीत; राष्ट्रगान; • **national song (n)** राष्ट्रगान; • **national language (n)** राष्ट्रभाषा; राष्ट्रभास; • **nationalism (n)** राष्ट्रवाद; राष्ट्रीय वृत्ती; राष्ट्रीयता; • **nationalist (adj)** राष्ट्रवादी; • **nationality (n)** राष्ट्रीयत्व; नागरिकत्व.

native (adj) धळावो; देशी; मुलकी; गांवगिरो; □ निजाचो; सभावीक; जल्माचो; • **(n)** मूळपुरुस; आदिवासी; • **native place (n)** जल्मस्थान; • **nativity (n)** जल्म; □ जेजूच्या जल्माचो देखावो; □ जल्मकुंडली.

natter (v) आपलेंभितर बडबडत रावप

natty (adj) (युनिफॉर्म) चक्क; टक्क; निवळ; □ चक्क बरें काम करपी; कर्तुंत्वी, हुशार; शिटूक.

natural (adj) सभावीक; निसर्गीक; निजाचो; जल्माचो; सैमीक; आसा तसो; सादो; • **natural history (n)** सैमशास्त्र; • **natural death (n)** निसर्गनिर्मांक घडून आयिल्लें मरण (अपघातान वा न्हय); • **naturalization (n)** परक्याक दिल्लें नागरिकत्वाचो अधिकार; □ परकी उतरांचे देशीकरण; • **naturally (adv)** सभावीकपणान; दुबावाविरयत; आपसूक.

nature (n) जल्मसभाव; सभावगूण, कालेत; □ नीज; सैम; निसर्ग; • **nature-cure (n)** निसर्गोपचार; • **natured (adj)** एक विशिश्ट कल वा धारणा आशिल्लो.

naught (n) शून्य; कांय ना; अभाव.

naughty (adj) अवजाळी; आडांगी; खटी; (सांगिल्लें) आयकनाशिल्लो; • **naughtiness (n)** अवजाळीपण; हडवंगां; मस्तेपण.

nausea (n) ओंकारो; चकनळ; धवळ; उमळ; वीट.

nautical (adj) तारवांसंबंदीत; तारवटग्यांसंबंदीत; □ समुदी (मार्ग).

naval (adj) आरमारासंबंदीत,

झुजा-तारवांसंबंदीत, नौसेनेसंबंदीत; • **naval base (n)** नाविक तळ.

nave (n) चक्राचो मदलो भाग; मदलो बुराक; □ इगर्जेचो मदलो मुखेल भाग; गाभारो.

navel (n) बोमली; नाभि; □ केंद्र; • **navel string (n)** नाळ; बांयटीची वार.

navigate (v) दर्यांत वा अंतराळांत वाहन भोंवडावप; वाहनाचें भोंवप; बोट वा विमान चलोवप; न्हंय वा दर्यांतल्यान प्रवास करप; • **navigable (adj)** (न्हंय, दर्या बी) तारूं, बोट चलोवंक योग्य असो; • **navigation (n)** नौपरिवहन; तारूं वा बोट चलोवप; समुद्रयात्रा; उदकांतली भोंवडी; • **aerial navigation (n)** विमानयात्रा; विमान चलोवप; • **navigator (n)** तारवटी; खलाशी; तांडेल; नौचालक; □ विमान चालक; □ दर्यांतले नवे प्रदेश सोदूंक भोंवपी यात्री.

navvy (n) मार्गाचें काम करपी मानाय; खणपी मानाय; □ माती खणपी यंत्र.

navy (n) नाविक दळ; जलसेना; नौसेना; देशाची तारवां-फौज; आरमार.

nay (adv) तितलेंच न्हय पूण; • **(n)** नकार.

neap (n) भांगपाणी; अश्टमीच्या अदमासाक पाणी चड भरना वा चड सुकना ती दर्याची अवस्था.

near (adj) म्हज्यांतलो; लागींचो; • **(adj)** म्हज्यांत; लागीं; • **nearly (adv)** लागीं लागीं; अदीक उणे; चड करून; सुमार; • **nearness (n)** आपलेपण; लागसारपण; बगल; • **near ones (n)** आपलो लोक; नात्यांतलो लोक; • **near ones with vested interests (n)** आलेभाव-कोलेभाव.

neat (adj) निवळ; निर्मळ; निगूत; ठाकठीक; रेखीव; मनमेकळो.

nebula (n) अंधूक दिसपी नक्षत्रमंडळ; □ दोळ्यांतलो मोतीबिंदू; • **nebulous (adj)** अंधूक; अस्पश्ट; हयन्हयसो; आकार नाशिल्लो; □ बुरसो; हळशिकावणो.

necessary (adj) गरजेचो; जाय असो; • **necessitate (v)** गरज लागप; जाय जावप; • **necessity (n)** गरज; चुकनाशिल्लें काम; वस्त बी; □ लाचारी; दुर्बळकाय; • **necessaries (n)** गरजेच्यो वस्तू.

neck (n) मान; गची; गळो; गोमटी; • **necklace (n)** गळसरी, हार, माळ बी; • **necktie (n)** (घो) टाय; ग्रावात.

nectar (n) अमृत; सुधा; □ कसलेंय म्होंवें पेय; □ फुलांतलें म्होंव.

née (adj) जिचें कुळारचें नांव, पूर्वनांव (अमकें) ती.

need (n) गरज; अडचण; □ गरिबी; दळदीर; • **(v)** जाय जावप; गरज पडप; गरज लागप; □ उणाव जावप; • **needful (adj)** गरजेचो; जाची गरज आसा असो; योग्य; • **needless (adj)** गरज ना असो; व्यर्थ; फुकटचो; कारण नाशिल्लो; • **needy (adj)** गरजू; गरजेवंत; गरीब.

needle (n) सूय; सुवी; □ कसलीय तोंकाची वस्त; • **(v)** शिंवप, गुथप, विणप, भरप बी; • **needlework (n)** सुयेन केल्लें काम; शिवण, भरतकाम, विणप बी; • **big needle (n)** दाबण.

nefarious (adj) दुश्ट; पाडो; पातकी; □ (करण्यो) अन्यायाच्यो, पाड्यो, पातकी, दुश्टपणाच्यो.

negate (v) न्हयकारप; रद्द करप; अमान्य करप; आडवारावप; • **negative (adj)** न्हयकाराचो; ना वा न्हय अशा अर्थाचो;

□ येस मेळचेंना अशे धारणेंचो; शुन्यापरस मोलान उणो; • (n) न्हयकार दिवपी उतर; □ फिल्माचें नॅगेटीव.

neglect (v) उवेखप; दुर्लक्ष करप; घाळप; बेपर्वाय करप; फावो तो मान दिनासतना रावप; अनादर करप; (संद) वगडावप; • (n) दुर्लक्ष; बेपर्वाय; आळसाय; उवेखणी; • **negligence (n)** दुर्लक्ष; हयगय; उवेखणी; घुसपागोंदळ; • **negligent (adj)** घाळ; घाळयो; बेजबाबदार; दुर्लक्ष करपी.

négligé (n) कशायकशे कपडे घाल्लो; • **negligee (n)** सदळ गावन.

negligible (adj) सामको किरकोळ; म्हत्व नाशिल्लो; सामको थोडो; नगण्य; जाचेकडेन लक्ष दिवची गरज ना असो.

negotiable (adj) (चेक, हुंडी बी) चलतली अशी; चलन म्हणून योग्य; वेव्हाराक योग्य; □ (रस्तो) बालाडुक जाता असो; (वेय) जी हुपूक जाता अशी; • **negotiate (v)** (प्रस्न सोडोवक) उलोवणी-बोलणी करप; देण्या-घेण्याचे उलोवप; समजाविशी घडोवप; मदेस्ती करप; • **negotiations (n)** उलोवणी बोलणी, वाटाघाटी; वेव्हारीक गजाली; मदेस्ती; • **negotiator (n)** मदेस्त; वकील; दूत; गजाली करपी.

Negro (n) (घो) निग्रो; आफ्रिकन वा आफ्रिकन वशावळीचो कृष्णवर्णी मनीस; • **negro (adj)** काळो.

neigh (v) घोड्याचें खंकाळप.

neighbour (n) शेजारी; शेजरा रावपी; म्हऱ्यांतलो; □ **(v)** शेजरा रावप; • **neighbourhood (n)** शेजार; लागसारपण; • **neighbouring (adj)** शेजारचो; लागीचो, तेकून आशिल्लो (देश).

nematode (adj) सुतासारको बारीक आनी लांब; • (n) सुताभाशेन किडो, दंत, नारू.

Nemesis (n) (ग्रीक पुराणांत) पातक करतल्याक ख्यास्त दिवपी देवता; • **nemesis (n)** फावता ती ख्यास्त; पानवळ; नीत (शिक्षा); □ (पातक केल्ल्यान जावपी) पाड; नाश.

neo (adj) नवो; आधुनिक; अर्विल्लो.

neon (n) (घो) निऑन; एक वायू (जो विजेच्या स्पर्शान तांबसार रंगान चकचकता)

neophyte (n) संप्रदायांत जाणें नव्यान प्रवेश केला अशी व्यक्ती; □ (रोमन कॅथलीक) नवो पाद्री; □ नवशिको; नवखो

nephew (n) पुतणयो; भाचो; भावाचो वा भयणीचो पूत.

nephology (n) कुपांसंबंदींचें शास्त्र; मेघविज्ञान.

nephritis (n) मुत्रपिंडाची सूज.

nepotism (n) अधिकारार आशिल्ले व्यक्तीन आपणाल्या वर्गणांतल्या लोकाक नोकऱ्यो, फायद्याचीं कंत्राटां बी दिवपाची करणी; स्वजनहितायवाद; आप्त-पक्षपात.

neptune (n) समुद्र देवता; वरूण; □ एक गिरो; (घो) नॅपच्यून.

nerve (n) मज्जातंतू; आंगाच्या खंयच्याय भागाक जाल्ली संवेदना मेंदवामेरेन पावोवपी तंतू; □ धिटाय; आत्मविस्वास; • **nervous (adj)** रोखडोच काचावून जावपी; भयाभीत जावपी; उचांबळपी; • **nervous breakdown (n)** नेरवा पिडा; कित्याकूय तोंड दिवपाची ताक वगडावप; गळसणणी.

nest (n) घोंटेर; जनावराची घोल; □ बीळ; (एकेच तरेच्या वस्तूंची) सांखळ; माळ; • **(v)** घोंटेर करप; घर करप; विसव घेवप.

nestle (v) विसव घेवप; ओलतेराचेर

बी पडून रावप; बसपाचें सूख घेवप; एकामेकांक तेंकून बसून सुखावप; कुरंगुटेन बसप; अर्दे दिसता अशें वसप (गांव दोंगरा कुशीक वसता).

net (n) रांपण; जाळें; जाळी; • **(v)** जाळ्यांत धरप; जाळें पातळावप; □ लाव घेवप.

net, nett (adj) कुल्ली; निव्वळ.

nettle (n) खातकुतलेचें झाड; खोरजे-झाड; • **(v)** सतावप; तिडावप; खातकुतल्यो घालप.

network (n) जाळें; संस्थेचें वा कंपनीचें पातळ्ळेले फांटे; संस्थेच्या फांट्यांचें जाळें; कसलेय यंत्रणेचें जाळें.

neuralgia (n) नेरवांचे दुखीन तकली उसळप; तकलेची फोडाफोड; • **neurology (n)** मज्जा-तंतू विज्ञान; तन्त्रिका विज्ञान; • **neurologist (n)** (घो) न्युरॉलॉजिस्ट; नेरवां-पिडेचो वैज; तन्त्रिका विज्ञानी; • **neurotic (adj)** नेरवां पिडेचो; मनस्ताप जाल्लो; परपरत उचांबळ जावपी; □ नेरवांचे पिडेचेर गुणाक पडपी वखद.

neuter (adj) नपुंसक (लिंग); (झुजांत वा वादांत) तटस्थ; उदासीन.

neutral (adj) (झुजांत) तटस्थ; तिरायत कसो; कोणाच्या झगड्या-झुजांत नाशिल्लो (देश); पक्षपातविरयत; • **neutralize (v)** प्रभाव देंवोवप; परिणाम जावपापासून वाटावप; • **neutrality (n)** निपक्षपातीपण; तिरायतपण.

never (adv) केन्नाच ना; कसोच ना; • **never more (adv)** परतून केन्नाच ना; फुडाराक केन्नाच ना.

nevertheless (adv) तरीपूण; तरीकूय; जाल्यारूय; अशें आसतनाय.

new (adj) नवो; आतांचो; ताजो; हालींसराचो; निकतोच पाविल्लो; नवसार; □ तयार जावंक ना असो (हरवो); • **new moon (n)** उमाशे उपरांतचो चंद्रीम; • **new born (adj)** आतांच जल्मल्लो; नवें जाल्लें (भुरगें); • **newcomer (n)** आतांच पावला असो; • नवो; • **newly (adv)** निकतोच; हालींच.

news (n) बातमी; खबर; वर्तमान; समाचार; नविदाद; • **newsy (adj)** खबरांनी कुचकुचीत भरिल्लो; • **newsagent (n)** खबरांपत्रांच्या दुकानाचो धनी; • **newscast (n)** रेडियो वा टीवीचेर खबरांची वितरावणी; • **newsman (n)** पत्रकार; खबरांकार; • **newspaper (n)** वर्तमानपत्र; खबरांपत्र; □ दिसाळें; □ पेपर छापचेलो कागद; • **newsmonger (n)** हुली उठोवपी; वदंता पिकोवपी; फाकायो घालपी.

next (adj) आसा ताचे फुडलो; उपरांतचो; मागीरचो; मुखावयलो; शेजारचो; सरशींचो; • **(adv)** मागीर; उपरांत; • **next door (n)** शेजारचें घर; • **(adv)** शेजरा.

nexus (n) जुळोवपी (जोडपी) वा मेळोवपी वस्त; बंधन; संबंद; नातें; □ घट्टबंदे; मेळ.

nib (n) पेनाचो आपार; नीब.

nibble (v) (हुंदरान बी) चाबडावप; कोरांतप.

nice (adj) चिकित्सक; सोपेपणी खोशी जायना असो; चत्रायेन काम करपी; शिटूक रावपी; बारीकसाणेचो; नेम पाळपी; □ (प्रस्न) गटखळ; (जबाब) सारको; बरोबर; □ (मनीस) बरो; इश्ट कसो; दयाळ; सद्वर्तनी; □ (वस्त) सोबीत; सुंदर; • **nice looking (adj)** सुंदर; रुपेस्त; • **nicely (adv)** बरे भाशेन; लक्षांत घेवन; • **nicety (n)** बारीकसाण; ठाकठीकपण.

niche (n) कुरकूट; कत्रेल; □ व्यक्तीखातीर योग्य स्थान (जिवितांत).

nick (n) ल्हान घाय; कातरो; खांप; दांतरो; □ बंदखण; पोलीस स्टेशन; □ स्थिती; अवस्था; • (v) चोरप; धरप; अटक करप; • **in the nick of time** ऐन वेळार.

nickel (n) एक धातु; अमेरिकेंत एक नाणें (पांच सॅण्ट); □ तवरें.

nickname (n) अडेनाव; म्हणपाचें नांव; □ तिडावपाचें नांव; पाडनांव.

nicotine (n) (घो) निकोटीन; तंबाखूंतलो अपाय करपी अर्क.

niece (n) धुवडी; पुतणयी; भाची; भावाची वा भयणीची धूव.

niggard (n) चामटो, चिकू, हिमटो मनीस; आशेचो, सुवार्थी मनीस.

niggle (v) ल्हान ल्हान कामांक वेळ वगडावप; बारीक-बारीक गजाली घेवन बसप; तरे धरीत रावप; पिरंगप; • (adj) किरकोळ; तुच्छ; जाची गरज ना असो; • (बरप) वाचूंक कठीण अशें.

night (n) रात; रातीचो काळोख; • **night of ignorance** (n) अज्ञानाचो काळोख; • **night blind** (n) रातांधळी व्यक्ती; • **nightfall** (n) तिनसाज; आमोरेचो वेळ; दीस धारेक वचपाचो वेळ; • **night-life** (n) रातीचें घराभायलें मौज-मजेचें जिवीत (क्लबांत; हॉटेलांत बी); • **night shift** (n) रातपाळी; राती वेळार करपाची नोकरी.

• **nightmare** (n) भयंकर सपन; कलकलायणी परिस्थिती; • **night walker** (n) न्हिदांत उठून चलपी मनीस; • **night-watch** (n) रातीची राखण; रातीचो राखणदार (गुरखो); • **night-watchman** (n) काळखाक बी लागून बरो गडो पडचो न्हय म्हणून दिसाचो खेळ सोंपच्या वेळार खेळूंक धाडिल्लो कनिश्ठ बॅटस्मन (क्रिकेटींत).

nightingale (n) मैना; बुलबुल; एक गावपी शेवणें.

nigrescent (adj) काळसावळो.

nihilism (n) शून्यवाद; मिथ्यावाद; सवसारांत कांयच तथ्य ना अशें मानपी तत्व.

nil (n) शून्य; कांयच ना अशी अवस्था; (बाकी) शून्य.

nimble (adj) मुडमुडीत; झरझरीत काम करपी; हुशार; चपळ; बुद्दीन तीख; तल्लख; • **nimble footed** (adj) धांवीधावी पावलां घालपी; झरझर चलपी; • **nimble witted** (adj) हजरजबाबी; चुरचुरीत उलोवपी; तोंडांत ल्हाय आशिल्लो; • **nimbleness** (n) हुशारी; उमेद; तरतरी; स्फूर्त.

nimbus (n) (चित्रांत संताच्या बी तकलेभोंवतणीं आसता तें) वलय; प्रभा; चकचक; □ पावसा-कूप.

nincompoop (adj) पिसो; अकलेन उणो; अडाणी; न्हेनो.

ninny (adj) पिसो; मूर्ख; अरवळ.

nip (v) चिमटो काडप; दामप; आंवळप; खुडप; • (n) चिमटो; □ आंग कातरपी हवा; फसल इबाडपी हवा; □ सोऱ्याचो घोंट.

nipper (n) कुल्लेचो दांगो; • **nippers** (n) वैजाचो चिमटो; कसलोय चिमटो वा कातर.

nipple (n) स्तनाग्र; थानाची चींव; बोमा-बाटलेची चींव.

nippy (adj) (वारें) थंड; आंग कातरपी, शिरशिरावपी.

nit (n) लीख; उयेचें तांतीं.

nitrogen (n) (घो) नायट्रोजन; एक वायू.

nob (n) तकली; बोड; • (v) तकलेर धपको मारप.

nobble (v) (दुडू) आडमार्गान जोडप; (गुन्यावगाराक) धरप.

Nobel Prize (n) (घो) नोबॅल पुरस्कार; एक जगप्रसिद्ध पुरस्कार; चड नामनेचें इनाम जें साहित्य, पदार्थ विज्ञान, वैजक विज्ञान, रसायनशास्त्र, अर्थशास्त्र, शांतताय ह्यापासत ऊंच मोलाचें काम करतल्यांक स्वीडन देश दिता. (आल्फ्रेड बी नोबॅल हांणी हें दवरलां); • **Nobel laureate** (n) जाणें नोबॅल पुरस्कार जोडला असो; नोबॅल जैतवंत;.

noble (adj) कुळवंत; मनान उदार; काळजान व्हड; निसुवार्थी; ऊंच घराण्याचो; • **nobility** (n) घराणें; खानदान; खानदानी वृत्ती; उदारपण; सज्जनपण; कुळाक सोबसारकें वर्तन.

nobody (n) कोण न्हय अशी व्यक्ती; जाका व्यक्तित्व ना असो मनीस; • (pron) कोणूच, कोणाकूच.

no-confidence (n) अविस्वास.

noctambulation (n) न्हिदांत चलप.

nocturnal (adj) रातीचो; रातीचो जागो रावपी (वावरापासत); रातीचो जागो आसपी (पक्षी).

nod (n) झेम; लकणी; □ मान्यताय दाखोवंक हालयल्लें तोंड; • (v) तकली हालोवन हयकार दिवप.

noddy (adj) भोळो; बाबत; झेंडफकाण; झेंपो.

node (n) गांठ; गूठ; गूंज; (झाडाक) कोंबरी फुटपाची सुवात; • **nodose** (adj) पेरां आशिल्लो; गूंजांचो.

nodule (n) ल्हान गांठ; गूंज; धोंग; कट्टूल.

nog (n) खुटी; फुकटो; कचर (लाकडाचें).

noise (n) आवाज; बोवाळ; कलकलाट; करंदाय; • **noiseless** (adj) थंड; शांत; बोवाळ ना असो (जागो); • **noisemaker** (n) बोवाळ करपी; बोबाटो; • **noisy** (adj) बोवाळाचो; बोबाट मारपी.

noisome (adj) घाणयारो; कुशिल्लो; भलायकेक वायट; □ त्रासांत घालपी; वीट हाडपी.

nomad (n) भोंवती जमात; गोरवांक चरवाक घेवन भोंवपी जात.

no man's land (n) शेजारी दोन देशांमदल्या शिमांमदलो पटो वा शीर (हाचेर कोणाचोच अधिकार ना अशें मानतात).

nom de plume (n) लेखकान आपणाक घेतिल्लें कल्पीत वा अडेनांव (ह्या नांवान लेखक आपलें बरप उजवाडायता).

nomenclature (n) जिनसांक नांवां दवरपाची रीत; □ (कला, विज्ञान बी उतरांची परिभाषा) नामावळ; उतरावळ.

nominal (adj) नांवापुरतो; नांवाचो; नांवधारी; सत्ता नाशिल्लो (राजा); □ सामको उणो; फकत नांव आशिल्लो.

nominate (v) खाशेल्या कामापासत नेमप; (एकादरे नोकरेपासत, वेंचणुकेक उबो रावंक) नांव सुचोवप, दिवप; • **nomination** (n) नेमणूक; नामांकन; नामनिर्देश; • **nominee** (n) जाचें नांव सुचयलां तो; अमकें एक काम करूंक नेमिल्लो; आपल्या मरणाउपरांत आपली येणी रक्कम घेवंक नियुक्त केल्ली व्यक्ती.

nonagenarian (adj) 90 तीं 99 वर्सां पिरायेमेरेनचो.

nonagon (n) णव कडांची आकृताय.

non-aggression (n) अनाक्रमण; एका देशान दुसऱ्या देशाचेर धुरी घालप ना

अशें बंधन.

non-alcoholic (adj) जातूंत मद्यार्क ना असो.

non-alignment (n) अलिप्तताय; एका देशान खंयच्याच शुजारी गटांत सामील जायनासतना रावप.

nonchalant (adj) उमेद नाशिल्लो; उदासीन; जाका कसलेंच पडूंक ना असो.

non-cognizable (adj) (गुन्याव) दखलपात्र नहय असो; तकलेंत घेपासारको नहय असो; लक्षात घेवपाचें योग्यतायेचो नहय असो.

non-cooperation (n) असहकार.

nondescript (adj) (प्राणी वा मनीस) जो अमकेच एके जातीत वा वर्गांत आमावना असो; अज्ञात जातीचो; जाचें वर्णन करूं नज असो.

none (pron) कोण नहय; • **(adj)** इल्ला लेगीत ना असो; • **(adv)** मात पूण ना.

nonetheless (adv) तरी लेगीत.

nonentity (n) महत्व नाशिल्ली व्यक्ती; कल्पनेंतली वस्त; • **(adj)** नगण्य.

nonsense (n) मूर्खपण; पचपच; बडबड; अर्थ नाशिल्ली गजाल.

non-stop (adv) थांबनासतना; रावनासतना; निरंतर; • **(adj)** मदीं थांवना असो.

non-vegetarian (adj) शिवराक नहय अशें, मासाचें, नुस्त्याचें वी (जेवण); मांसाहारी.

non-violence (n) अहिंसा.

noodle (n) (घो) नुडल; शेवय (खाण); □ मूर्ख; अरवळ..

nook (n) कोनसो; एकांडी थंड सुवात.

noon (n) दनपार.

noose (n) कोयणी; गोळ; □ गांठ; बंधन.

norm (n) प्रमाण; मान्य जाल्लो नमुनो

normal (adj) सदचो; सामान्य; चालत; सभावीक; आसूंक जाय तसो; • **normal school (n)** शिक्षक विद्यालय; • **normalize (v)** सामान्य स्थितीर येवप; चालंत परिस्थितीर येवप; परिस्थिती सामान्य जावप; सारकी जावप.

north (n) उत्तर दिशा; • **north-east (n)** उत्तरपूर्व; इशान्य दिशा; • **north-west (n)** उत्तर अस्तंत; वायव्य दिशा.

North Pole (n) उत्तर ध्रूव.

nose (n) नाक; • **the end of nose (n)** नाकाटो; • **nose ring (n)** नथ; • **nosey (adj)** हुंगो; खंय कितें शिजता, चलता ताचो वास घेत रावपी; □ लांब नाकाचो.

nosegay (n) फुलांचो लहान तुरो.

nostalgia (n) आदल्या दिसांचो उगडास; परकेकडेन रावतना आपल्या गांवचा, घराचो आकूळ-पिकूळ करपी उगडास, अध्रेकरणी.

nostril (n) नाकपुडी.

nostrum (n) जडी-बुटी; पाळा-मुळा; झाडपालो; □ राजकी वा समाजीक प्रस्नाचेर झटपट उपाय.

notable (adj) खाशेलो; खेगंत; जाचेकडेन लक्ष दिवंक जाय असो; नोंद घेवपासारको; चत्राय दिवपासारको.

notary, notary public (n) (घो) नोटरी; कागदां-पत्रां प्रमाणीत करपी सरकारान नेमिल्ली व्यक्ती; लेखप्रमाणक.

notation (n) (घो) नोटेशन; संगिताच्या सुरावटींचीं चित्रां; सूरलिपी; संख्या दाखोवपाचीं चित्रां.

notch (n) करवण; कातरो; खांप; खांच; दांतरो; • **(v)** करवण घालप; खांप मारप;

• **notched (adj)** दांतऱ्यांचो.

note (n) चीट; टांचण; खूण; □ सूर; □ दुडवांची नोट; □ नामना; • **(v)** बरोवन दवरप; मतींत दवरप; पळोवन घेवप; • **noted (adj)** नामनेचो; प्रसिद्ध; नांवादीक; लोकीकवंत; • **noteworthy (adj)** लक्षांत दवरपासारको; म्हत्वाचो; उगडास करपाचो.

nothing (n) शून्य; कांय ना;□ म्हत्व नाशिल्ली वस्त वा मनीस; □ अभाव; • **(adv)** मात पूण ना; केन्नाच ना.

notice (n) (घो) नोटीस; कळोवणी; सुचोवणी; इशारत; • **(v)** पळोवप; लक्षांत घेवप.

notify (v) परगटावप; सुचोवप; जाहीर करप; कळोवप.

notion (n) धारणा; बोध; कल्पना; समजिकाय; जाणकारी; अदमास; विचार; मत; येवजप; इरादो; इत्सा.

notoriety (n) नामना; फांक; घाणायल्लें नांव; अपकीर्त; इबाडिल्लो नांवलोकीक; • **notorious (adj)** (वायट कामाक लागून) बदनाम; नांवाडगो; नांव घाणायल्लो; □ (घडणूक) जी सगले जाणात अशी.

notwithstanding (prep) तरी लेगीत; अशें आसतनाय.

nought, naught (n) शून्य; कांय ना; अभाव.

noun (n) (व्याकरणांत) संज्ञा; नाम; नांव.

nourish (v) खाण-जेवण दिवप; पाळप-पोसप; वाडोवप; फाटबळ दिवप; आस्त बाळगप; • **nourishing (adj)** पुश्टीक; भलायकेक बरो; शक्त वाडोवपी; • **nourishment (n)** पुश्टीक खाण-जेवण; पोसवण; खुराक.

nouveau riche (n) नवश्रीमंत; हालींचो श्रीमंत.

novel (n) नवलिका; कादंबरी; • **(adj)** नवो; नवलांचो; नवखो; अजापाचो; • **novelette (n)** ल्हान कादंबरी; लघु कादंबरी; • **novelist (n)** नवलिकाकार; कादंबरीकार; • **novelty (n)** नवेपण; नविदाद; नवें; नवलाय; अजापाची गजाल; अपरुपाय.

November (n) नोव्हेंबर; क्रिस्ती वर्सांचो इकरावो म्हयनो.

novena (n) नोवेन; (कॅथलिकांचो) णव दिसांचो उत्सव.

novice (n) नवशिको; (कसल्याय कामांत) नवसार व्यक्ती; उमेदवार; अणभव नाशिल्लो.

now (adv) आतां; आतांच; ह्या वेळार; हालीं; तुर्तांक; • **(n)** वर्तमानकाळ; हो वेळ; • **(conj)** जेन्ना; • **nowadays (adv)** आयजकाल; हालींसराक; ह्या दिसांनी; हालीं.

noxious (adj) अपाय, लुसकान करपी; लुसकानाचो; विखारी.

nozzle (n) पी; तोटी.

nuance (n) बारीक भेद, अंतर (रंग, अर्थ, भावना, मत हांतलो); • **nuance of colour (n)** रंग एकूच पूण तरेकवार सया.

nub, nubble (n) कोळशाचो गुळो; रास; • **nub (n)** सार; संक्षेप; मुद्दो.

nubile (adj) लग्नाक योग्य (चली); लग्नाचे पिरायेची; (जायेसान बी) दोळ्यांत भरसारकी.

nuclear (adj) अणुकेंद्रासंबंदींचो; अणुशस्त्रासंबंदींचो; अणुकेंद्रीय.

nucleus (n) अणुकेंद्र; जाचेभोंवतणी हेर पुंजा जातात असो मध्य; केंद्रबिंदू.

nude (adj) उकतो; आंगार वस्त्र

नाशिल्लो; नग्न; नागडो; विवस्त्र; ◻ नग्न चित्र वा मुर्ती; • **nudism (n)** नग्नतावाद; • **nudity (n)** नग्नता; नागडी अवस्था.

nudge (v) लक्ष ओडपाक कोपर मारप; बखांदी मारप.

nugget (n) भुंयेंत सापडलेलो भागराचो कुडको (अशुद्ध).

nuisance (n) उपद्रव; पिडा; किटकीट; सतावणी.

null (adj) नूल; बातील; निर्फळ; पोको; अर्थ नाशिल्लो; • **null and void (adj)** कायद्याचे नदरेन बातील; पोको; जो चलचोना असो; • **nullify (v)** (कायद्याचे नदरेन) रद्द करप; ना करप.

numb (adj) सुन्न; जड गुळो कसो; (थंडेन) भेरेल्लो, चेतना वगडावन बशिल्लो.

number (n) आंकडो, संख्या, ◻ क्रमांक; ◻ नेमाळ्याचो अंक; वचन; • **(v)** आंकडो, क्रम बरोवप; मेजप; क्रमांक घालप.

numeral (n) संख्या दाखोवपी चित्र, कुरू (पत: अरबी कुरू V=5, X=10); • **(adj)** संख्येचो, संख्या दाखोवपी.

numerate (adj) गणीत आनी विज्ञानाची बुनयादी तत्वां जाणा जाल्लो.

numeration (n) गणटी; आंकडे बरोवप; नंबर घालप; • **numerator (n)** गणक; नंबर घालपी व्यक्ती वा यंत्र; मेजपी व्यक्ती वा यंत्र; ◻ अपुर्णांकांतलो अंश; भाज्य.

numerology (n) अंकविद्या; जन्मतिथींच्या आधारान वा आंकड्यावयल्यान भविष्य पारखुपाचें शास्त्र; • **numerologist (n)** अंकविद्याविशारद.

numerous (adj) जायते; चड; खूब; भोव.

nun (n) (क्रिस्ताव धर्मात) माद्री; जोगीण; मठवाशीण; • **nunnery (n)** कोंवेंत; माद्रींचो मठ.

nuncio (n) पापसायबाचो दूत; प्रतिनिधी.

nuptial (adj) लग्नाचो; लग्नासंबंदीत; • **nuptials (n)** लग्न.

nurse (n) (घो) नर्स; आया; पिडेस्तांची उस्तवारी करपी व्यक्ती; भुरग्याक सांबाळपी बायलमनीस; • **(v)** भुरग्यांक आंगार दूद दिवप; ◻ पिडेस्ताची उस्तवारी काडप; ◻ रोप्याची जतनाय घेवप; ◻ मनांत भावना केळयत रावप (दुवेसाची, मत्सराची बी); • **nursery (n)** बालवाडी; पायण्या-घर; भुरग्याक सांबाळपाची सुवात; ◻ रोपां वाडोवपाचें पोरसू; • **nursery rhymes (n)** बालगितां; • **nursing (n)** पिडेस्तांची सेवा, भुरग्यांची सांबाळ बी.

nurture (v) (भुरग्याच्या, रोप्याच्या) विकासाक, वाडीक हातभार लावप, मजत करप; • **(n)** जेवण-खाण.

nut (n) कट्टें आशिल्लें फळ, बी, भिकण; ◻ (घो) नट; मळसूद; • **nutshell (n)** फळाचें वा म्हेवल्याचें कट्टें; नाल्ली; • **nutcracker (n)** आडकाती; • **nutmeg (n)** जायफळ; • **nuts (n)** गड्डो; बोंडो; भोटो.

nutrient (n) पुश्टीक जिनस; • **nutrition (n)** पुश्टीक अन्न, खाणजेवण; ◻ पोसवण; • **nutritive (adj)** घटाय दिवपी; शक्त वाडोवपी; पुश्टीक; अन्न जाल्ल्यान गरजेचो.

nux vomica (n) काजरो.

nuzzle (v) नाक घांसप; (घोडो वा सुणो करता तशें); ◻ कुरंगुटेन बसप; हुंगून सोदप.

nylon (n) (घो) नायलॉन; एक धागो (रसायनीक पदार्थाचो).

nymph (n) (ग्रीक, रोमन कथांतली) वनदेवी, जलदेवी बी.

O o

O o रोमी अक्षरमाळेचें पंदरावें अक्षर.

oaf (n) अरवळ मनीस; अन्नाडी.

oak (n) 'ओक' वर्गणांतलो रूख; □ लागून आशिल्ल्या कुडींचो भायलो मुखेल दरवटो.

oakum (n) पोरण्या राजवाचो पिंजिल्लो काथो (जाचो उपेग तारवाक पडिल्ल्यो चिली भरूंक करतात).

oar (n) व्हलो; • **(v)** व्हलो मारप; होडें ताणप.

oasis (n) वाळवटांतली वनस्पत वा झरो आशिल्ली सुवात; ओलवण; मरुवन; □ प्रसंगाक मेळिल्लो आधार.

oast (n) (बीयर बी करपाची) भट्टी.

oath (n) सोपूत; प्रमाण; वचन; उतर.

obdurate (adj) आपलें तें खरें करपी; निश्ठूर; घट काळजाचो; जिद्दी; हटी; सांगिल्लें आयकना असो; केल्ले करणेचो पच्छताप जायना असो.

obedience (n) आज्ञापालन; • **obedient (adj)** आज्ञा पाळपी; नम्र; सांगिल्लें आयकुपी.

obeisance (n) नमन; वंदन; प्रणाम; जाणट्यांचो, वडिलांचो मानभोवमान, आदर-सत्कार; देवाक पांयां पडप.

obelisk (n) सुळको कसो यादस्तिकाचो चार कडांचो खांबो.

obese (adj) आंगान मोटो; लठ्ठ; • **obesity (n)** आंगाक आयिल्ली मोटपाण; आंगांत चरबेची वाड.

obey (v) आज्ञा पाळप; सांगिल्लें करप.

obfuscate (v) (मनांत) दुबाव रिगोवप; गोंदळावप; मत गदळावप; घुसपावप; पिशार घालप.

obituary (n) मरणाची खबर, कळोवणी; मेल्ले व्यक्तीची संक्षिप्त वळख; • **(adj)** मरणासंबंदीत.

object (n) वस्त; जिनस; पदार्थ; □ हेतू; इरादो; कर्म; ध्येय; □ अभ्यास करपाचो विशय; • (दयेची बी) गजाल; • **(v)** आक्षेप घेवप; विरोध करप; आडखळ हाडप; आडावप; • **objection (n)** आक्षेप; विरोध; आडमेळें; • **objective (n)** हेतू; इरादो; विशय; • **(adj)** सत्य; वस्तुनिश्ठ; अस्तित्व आशिल्लो; आसा तसो; • **objectionable (adj)** वायट; अप्रिय; आक्षेप घेवपासारकी (भास).

objurgate (v) दटावप; तापोवन काडप.

oblation (n) देवापांयार भेट; ओंपणी; दैवी शक्तीक भेटवण; निवेद्य; □ बळी; मान; □ दान.

obligate (v) पांगेंत दवरप; बांदून घेवप;

• **obligation (n)** कर्तव्य; लागणूक; बंधन; □ उपकार; आभार; कृपा; □ कबलात; वायदो; जबाबदारी; • **obligatory (adj)** बंधनकारक; घेवंकूच जाय असो (शिकपाचो विशय); अनिवार्य.

oblige (v) दुसऱ्याचेर (अमकेंच) करपाची परिस्थिती हाडप; बाध्य करप; पागेंत दवरप; □ उपकार, कृपा करप; □ खोशी करप.

oblique (adj) पालसो; देंवतो; तिरकस; वांकडो.

obliterate (v) पुसून उडोवप; निशाणी लेगीत दवरप ना; नानपश्यात करप; काबार करप; □ पोस्टाचो छाप मारून बाद करप.

oblivion (n) विसराय; विस्मरण; भूल; उपेक्षा; • **oblivious (adj)** विसरून गेल्लो; जाका याद जायना असो; उगडास वगडायल्लो.

oblong (adj) रुदायेपरस लांबाय चड असो; लांबोडो; आयताकृती.

obnoxious (adj) घाणयारो; बुरसो; गाठ विटपासारको; हिडीस; □ सकश्टात घालपी; भयंकर; पाडो.

oboe (n) दोन नळ्यांची मुरली.

obscene (adj) अश्लील; पोजडो.

obscure (adj) अधूक; (कोनशाक आशिल्ल्यान) अस्पश्ट; (लेखक) नाव जोडूंक नाशिल्लो; आयकिवात नाशिल्लो; (कविता बी) समजूक कठीण; □ (रंग) फिको; • **(v)** लिपोवप; धापप; पडडो उडोवन दिसनासो करप; (कुपा आयिल्ल्यान) दिसना जावप; आपणें अदीक नामना जोडून दुसऱ्याचेर आडोस घालप; • **obscurant (n)** बदल आडावंक वावुरता तो; परपरावादी; • **obscurity (n)** काळोख; सावट; अस्पश्टताय; कळपाक कठीण अशी परिस्थिती; अज्ञातवास.

obsecrate (v) प्रार्थना करप; हातापांयां पडप; याचना करप; गळवज्ञा येवप.

obsequies (n) (प्रेताचेर) अंत्यसंस्कार; स्मशानयात्रा; फुनेराल; दफन.

obsequious (adj) लेंग लेंग करून बरेपण जोडपी; बंदो कसो वावुरपी; 'हय सायबा' करून जियेवपी; पाळवो; दुसऱ्याक खोशी करूंक कितेंय करपी.

observe (v) नदर दवरप; लक्षांत घेवप; बारिकसाणेन पळोवप; (नेम बी) पाळप; (परब, दीस) मनोवप; मत परगटावप; शेरो मारप; (व्रत) करप; • **observance (n)** (कायदे नेमांक दिल्लो) पाळो; मान; (व्रताचें, परबेचें) पालन; धर्मीक अनुश्ठान; • **observant (adj)** कायदे-नेम हाचे बारिकसाणेन पालन करपी; सादूर; जागरूक; • **observation (n)** निरिक्षण; बारीक नदर; तेळणी; □ शेरो, मत; विचार; • **observation post (n)** तेळणी करचेलें मेट; • **observatory (n)** वेधशाळा.

obsess (v) तकलेक नाद लावन घेवप; एकूच घेवन बसप; बादा जावप; (कोणतरी) गोमटेर बसप; • **obsession (n)** तकलेक लागिल्लो नाद; पिशें; बादा.

obsolete (adj) उपेगांत नाशिल्लो; चलनांत नाशिल्लो; चालत न्हय असो; पोरण्या काळांतलो; आज चलना असो.

obstacle (n) वाटेवयलें आडमेळें; अडचण; विघ्न; बादा; आडावण.

obstetrics (n) प्रसुती-विज्ञान; प्रसुती-विद्या; □ वैजीणपण (बायटेर करप); • **obstetrician (n)** प्रसुती-तज्ञ; प्रसुती-शास्त्राचो वैज; बांयटींचो वैज.

obstinate (adj) हटी; आपलें तेंच खरें म्हणपी; झंड; हिंचण; • **obstinacy (n)** हट; दुराग्रह.

obstreperous (adj) बोबाटो;

खवदळो; उर्मट; कोणाक आयकनाशिल्लो; उपद्रवी.

obstruct (v) वाट आडावप; वाटेर आडमेळीं घालप; मार्ग बंद करप; बादा हाडप; • **obstruction (n)** आडमेळें; बादा; आडखळ; आडावण; विघ्न; • **obstructionist (n)** लांब भाशण ठोकून बील पास जावपाचें आडावपी; वेळ काडपी.

obtain (v) मेळोवप; प्राप्त करप; □ (एकादरी चाल) चालंत आसप, चलप.

obtrude (v) (मत बी) लादप; जबरदस्तीन मुखार दवरप; आपयनासतना उपस्थीत रावप; आगांतूकपण करप; 'मज घे' करून आपणाक दुसऱ्याचेर थापप; • **obtrusive (adj)** आपोवंक नासतना दुसऱ्याचे कार्यावळींत घुसपी; नाका थंय दिसपी; हिंचण कसो फाटीक लागपी; □ (वास) झणझणीत.

obtuse (adj) जिका धार वा तोंक ना अशी (सुरी); मुनिल्ली; □ मेंगो; सुस्त; बुद्दीन मंद; □ विशालकोनी; • **obtuse angle (n)** विशालकोन.

obverse (adj) मुखावयलो; फुडलो; बावलो आशिल्ली (नाण्याची बाजू); पूरक; • **(n)** फुडो; मुखेल वट; पूरक अंश.

obviate (v) पयसावप; कुशीक सारप, काडप; निवारप.

obvious (adj) स्पश्ट दिसपी; समजूंक, कळूंक सोपो (अर्थ); जाचेविशीं दुबाव ना असो; उकतो; उगडापो.

occasion (n) फावट; खाशेलो प्रसंग; सुयोग; बरो वेळ; बरी संद; कारण; वगत; • **(v)** फैदा करप; कारण जावप; उपस्थीत करप; • **occasional (adj)** संद मेळटा ते प्रमाण केल्लो; (पावस) अदींमदीं पडपी; (कविता) खास प्रसंगापासत घडिल्ली; • **occasionally (adv)** अदींमदीं; केन्नाकेन्ना.

Occident (n) अस्तंतेचे युरोप, अमेरिकेंतले बी देस; • **occident (n)** अस्तंत; पश्चिम.

occipital (adj) तकलेच्या फाटल्या भागासंबंदीत.

occult (adj) गूढ; गुप्त; मनशाच्या गिन्याना पेलो; • **the occult (n)** तंत्र, मंत्र, करणी बी.

occupy (v) (जाग्यार) वास्तव्य करप; जागो घेवप; जागो आडावप; सत्तेचें आसन आडावप; आसनार बसप; (अध्यक्ष) पद घेवप; ताबो घेवप; □ (मन) गुल्ल दवरप; • **occupant (n)** जाग्यार, घरांत जो रावता तो; अधिकारार आसपी व्यक्ती; जाचेकडेन ताबो आसा ती व्यक्ती; • **occupation (n)** वेवसाय; वावर-धंदो; उद्देग; □ ताबो; अधिकार.

occur (v) घडप; मनांत उद्भवप; सुचप; येवजप; (तेल दर्यापोंदा) मेळप; • **occurrence (n)** घडणी; प्रसंग; घडिल्ली गजाल.

ocean (n) महासागर; □ विशाल प्रदेश (रेंवेचो महासागर); • **oceanography (n)** सागरविज्ञान.

ochre (n) शेड (माती).

o'clock (adv) वरांचेर.

octagon (n) अश्टभूज; अश्टकोन; आठ कोनांची आकृताय.

octane (n) गाजोलिनांत आशिल्लो एक म्हत्वाचो घटक.

octave (n) कार्यावळीचो आठवो दीस; अश्टक; आठ वस्तूंचो पुंजो; (संगितांत) अश्टम स्वर; (कवितेंत) आठ ओळींचें कडवें.

octavo (n) आठवो वांटो; फोलीचो आठवो वांटो; एक अश्टमांश.

octennial (adj) आठ वर्सांनी येवपी.
octet (n) आठ वाजोवप्यांनी वाजोवपाची संगीत-रचना; आठ जाणांचो पंगड; अश्टक.
October (n) ऑक्टोबर; क्रिस्ती वर्सांचो धावो म्हयनो.
octogenarian (adj) 80 तीं 89 वर्सां पिरायेची (व्यक्ती).
octopod (adj) आठ पांयांचो (प्राणी).
octopus (adj) आठ भुजांचो (दर्यांतलो प्राणी).
octosyllabic (adj) (कवितेच्या) एका चरणांत आठ अक्षरांचो (छंद); अश्टाक्षर (छंद).
octroi (n) (घो) ऑक्ट्रोय; जकात; नगरपालिका सरादीत भितर सरतल्या म्हालाचेर पटी.
octuple (v) आठ पट करप.
ocular (adj) दोळ्यांसंबदींचो; नदरेचो; दिश्टीचो; • **oculist (n)** दोळ्यां-पिडाचो वैद्य.
odd (adj) विक्षिप्त; तिरसुवाद; □ अवांतर; वरकड; □ पारकी; वेगळो; □ एकोडो; फुटकळ; □ विशम; गड्ड्यातलो (जाका दोनांनी भागूंक येना असो); • **(n)** गडें; • **oddity (n)** विक्षिप्त, तिरसुवाद मनीस; • **odds (n)** संभावना; शक्यतायो; तफावत; फरक.
ode (n) व्यक्तीक, वस्तूक, देशाक वी उद्देशून बरयल्ली कविता.
odeum (n) संगीत विद्यालय; नाट्य विद्यालय.
odious (adj) हळशिकावणो; नाकासो दिसपासारको; अमंगळ.
odium (n) (व्यक्ती वा वस्तूविशीं) तिरस्काराची भावना; संताप.
odometer (n) अंतर मेजपाचें यंत्र.
odontology (n) दंतविज्ञान; दांतांचें शास्त्र.
odour (n) परमळ; वास; गंध; घमघम; दळ; □ घाण; दुर्गंध; □ खर वास; • **odourless (adj)** वास, दळ नाशिल्लो.
Odyssey (n) महाकवी होमरान रचिल्लें दोंतलें एक महाकाव्य (दुसरें इलीयड); □ धाडसाची तशी संकश्टाची दीर्घ भोंवडी; संकश्टयात्रा.
oesophagus (n) अन्ननळी.
offal (n) भायर उडोवपाच्यो वस्तू; कावल; □ जनावरांचे खायनात ते भाग.
offence (n) आक्रमण; घुरी; हल्लो; □ अपमान; आघात; दुखोवपी गजाल; □ अपराध; बेकायदेशीर करणी; • **offend (v)** (कायदो, नेम) मोडप; चूक करप; अपमान करप; दुखोवप; □ वायट दिसप; • **offender (n)** अपराधी; गुन्यावगार; कायदो मोडपी; • **offensive (n)** घुरी; हल्लो; आगळीक; आक्रमण; • **(adj)** हळशिकावणो; घाणयारो; अपमानाचो.
offer (v) अर्पण; अर्पूक फुडें सरप; प्रस्ताव मांडप; • **(n)** प्रस्ताव; भेट; □ वस्तूपासत दिवचें केल्लें मोल; • **offering (n)** भक्तीन दिल्ली भेट; दान; देणगी; उकलास.
office (n) कार्यालय; कचेरी; □ अधिकाराची सुवात; □ कृपा; आधार; बरेपण; □ कर्तव्य; वावर; उद्देग; • **office-bearer (n)** पदाधिकारी; • **office hours (n)** कार्यालयीन वरां; • **officer (घो)** ऑफिसर; अधिकारी; □ **official (adj)** अधिकृत; □ राजकी; सरकारी; शासकी; • **(n)** पदाधिकारी; अधिकृत वावरार आशिल्ली व्यक्ती; □ **official language (n)** राजभास; प्रशासकी भास; सरकारी भास; • **officialize (v)** अधिकृत करप; सरकारीकरण करप; •

officiate (v) अधिकृत रितीन कार्यभार सांबाळप; (दुसऱ्या अधिकाराचे) बदली काम करप; • **officious (adj)** अधिकार गाजोवपी; दुसऱ्याच्या वेव्हारांत मेतेर जावपी; गरजेभायर फुडें फुडें करपी.

off-print (n) छापिल्ली वरकड, अवांतर प्रत.

off-season (adj) मोसम ना तेन्नाचो; मंदेवेळावयली (सूट बी).

offset (n) कोंब; आंकरी; □ तुसकान-भरपाय; □ घराचे वणटी भायर आशिल्ली गलेरी; • **offset printing (n)** (घो) ऑफसॅट छापणावळ; प्रतिरूप मुद्रण.

offshoot (n) ताळी; खांदी; फांटो; आंकूर.

offshore (adj) दयदिगेपासून कांय अंतरार दर्यांत वा दर्याचेर आशिल्ली (तेला बांय); दर्याच्या कांठासावन दर्यावटेन व्हांवपी (वारें).

offspring (n) अपत्य; संतान; संतत; भुरगीं-बाळां; प्राण्याची पिलावळ.

off-time (n) उसरपत; फुरसत; फाविल्लो वेळ.

often (adv) जायतेदां; जायत्या फावटी; परपरत; निस्सं निस्सं.

ogive (n) तोरण.

ogle (v) आसक्त नदरेन पळोवप; तिरशे नदरेन पळोवप.

ogre (n) (काणयांतलो) मनीस-खायरो राकेस; नरभक्षक; □ भयांकृत मनीस.

oil (n) तेल; तेलाच्यो जायत्यो जाती; • **(v)** तेल लावप; तेल चोळप; तेल रगडप; तेल घालप (यंत्राक बी); □ लांच दिवप; • **oils (n)** ऑयल पेंट्स; • **oily (adj)** तेलाचो; तेलाभाशेन; तेलान भरिल्लो; □ चड आपलेपण दाखोवपी; • **oilcake (n)** पेंड; • **oilfield (n)** तेलाखणींचो प्रदेश.

ointment (n) लेप; मलम; वटणें; बाम.

O.K., Okay (int) बरें आसा! • **(n)** मान्यताय; पसंती.

old (adj) पिरायेन जाणटो; उतार पिरायेचो; अमकीच एक पिराय आशिल्लो; पोरणो; जाणटो; वापरून पोरणो जाल्लो; पुर्विल्लो; • **old age (n)** जाणटी पिराय; • **old hand (n)** (काम करतल्यांत) चड अणभवी; • **the old (n)** म्हातारे लोक.

oleander (n) कणेर.

olfactory (adj) वासाविशीं; वास घेवपाचो.

oligarchy (n) थोड्याच व्यक्तींच्या हातांत आशिल्लें राज्य; अल्पसत्ताक राज्यपद्दत.

olio (n) खिचडी, खतखतें बी प्रकार; □ विविधा.

olive (n) तांतयांचे आकृतायेचें एक फळ; ह्या फळाचें झाड वा लाकूड; □ हरव्या फळाचो पाचवो रंग; • **olive branch (n)** शांततायेचें प्रतीक कशी ओलीव झाडाची ताळी.

Olympic (adj) ऑलिंपीक खेळांसंबंदीत; • **Olympics (n)** ऑलिंपीक खेळ; • **Olympic Games (n)** पुर्विल्ल्या ग्रीस देसांत ऑलिंपिया नगरींत दर चार वर्सांनी जाताले ते खेळ; □ हालींसराक दर चार वर्सांनी जातात ते ऑलिंपीक खेळ.

ombudsman (n) सरकारी अधिकाऱ्यांआड केल्ल्यो वा हेर तक्रारी तपासूंक घडिल्ली कायदेशीर यंत्रणा; लोकपाल.

omega (n) ग्रीक अक्षरमाळेंतलें निमाणें अक्षर (= ओ); □ माळेंतलो निमाणो

वांटो; निमाणी खिस्त; निमाणें प्रकरण; अंत; • **Alpha and Omega** = आदि आनी अंत.

omelet(te) (n) (घो) ऑमलेट; कांदो, मिरसांग घालून केल्लो तांतयांचो पोळो.

omen (n) फुडारासंबंदीची शिटकावणी; संकेत; लक्षण; सुलूस; शकून; • **good omen** (n) सुगुर्वो; शुभशकून; • **bad omen** (n) अपशकून; • **ominous** (adj) अपशकुनी; अमंगळ; आचारवाणो.

omit (v) (आसपावन घेनासतना) दवरप; कडसरावप; कडाळप; भायरावप; टाळप वा घाळप; • **omission** (n) कडसरावणी; कडाळणी; सांडणी.

omni (adj) सगलो; • (adv) सगल्याक; • **omnibus** (n) व्हड बस; □ सर्वग्राही; जातूत जायत्या वस्तूंचो वा आगाचो आसपाव आसा असो; • **omnibus edition** (n) बरोवप्याच्या चडशा वा सगल्या ग्रंथांचो संग्रह; • **omnifarious** (adj) सगल्या तरांचो; • **omnipotent** (adj) सर्वशक्तीमान; सर्वपदवेदार; • **omnipresent** (adj) सर्वव्यापी; एकेच फावटी सगल्याक आसा असो; • **omniscient** (adj) सर्वज्ञ; • **omnivorous** (adj) सर्वभक्षी; सगलें भकपी; □ मेळटा तें वाचपी.

once (adv) फकत एक फावट; एके खेपे; एक फावट; • (conj) जेन्ना; जसो; • **at once** रोखड्यारोखडो; ताबडतोब.

oncoming (adj) मुखार येवपी; फुडाराक येवपी.

one-act play (n) एकांकी नाटकुलें; • **one-man show** (n) एकपात्री प्रयोग.

onerous (adj) कठीण; भारी; पुरो करपी; कश्ट दिवपी; पेलूंक अवघड.

ongoing (adj) चालंत; चलतो.

onion (n) कांदो; पियाव.

onlooker (n) घडणूक पळोवपी; प्रेक्षक; प्रसंग घडटना म्हऱ्यांत उपस्थित आशिल्लो मनीस.

only (adj) एकूच, एकटो; एकूच एकलो; अद्वितीय; • (adv) फकत; मात्र; • (conj) पूण; खेरीत.

onset (n) आक्रमण; घुरी; हल्लो; □ सुरवात; आरंभ.

onshore (adj) दर्यातल्यान कांठाकडेन येवपी (वारें); कांठाचो.

onslaught (n) नेटाची घुरी; भयांकृत हल्लो; खर टीका.

ontology (n) अस्तित्वमीमांसा.

onus (n) भार; कर्तव्य; लागणूक; जबाबदारी; दायज; पत्कर.

onyx (n) एक रंगीत तासांचो खडो.

ooze (n) चिखल; गाळ; व्हांवती पातळ घाण; • (v) झिरपप; (रगत) हळूहळू भायर येवप; उमळून येवप; □ भावना मेकळेपणान परगटप.

opal (n) नीलमणी; दूदखडो.

opaque (adj) अपारदर्शक; जांतल्यान आरपार दिसना अशी (वस्त); जांतल्यान उजवाड वचूक शकना अशी (वस्त).

open (adj) उकतो; मेकळो; धांपूंक नाशिल्लो; असवडीचो न्हय असो; मेकळ्या मनाचो; • (v) उकतो करप; उकतो जावप; मेकळो करप; परगटावप; आरंभ करप; उक्तावण करप; • **opener** (n) हवाबंद बाटल्यो, फोलिणा बी उगडपाची चावी; • **open-hearted** (adj) मोगाळ; मनमेकळो; • **opening** (n) उक्तावण; उद्घाटन; आरंभ; □ बोंधो; चील; दार; मूख; उकती सुवात; □ सुयोग; संद; • (adj) पयलो; आरंभाचो; सुरवातीचो; उद्घाटनाचो;

• **open letter (n)** एकादरे व्यक्तीक लेखून वर्तमानपत्रांतल्यान बरयल्लें पत्र; • **openly (adv)** उकतेपणीं; • **open-mouthed (adj)** वसवसो; मेळटा ताचो सोस आशिल्लो; आशेभगत; भकारो; • **openness (n)** उकतेपण; मेकळेपण; उदारपण.

opera (n) संगितिका; गीतनाट्य.

operate (v) (यंत्र) चलप, चलोवप; शस्त्रक्रिया करप; व्यापार बी चलोवप; सैनिकी उपाय घेवप; लागू जावप; परिणाम जावंक लागप; करप; जावप; • **operation (n)** (घो) ऑपरेशन; शस्त्रक्रिया; □ कृती; काम; व्यापार; □ फौजी उपाय; • **operator (n)** यंत्र चलोवपी; शस्त्रक्रिया करपी; □ (टेलिफोन) ऑपरेटर.

ophthalmia (n) दोळ्यांची पिडा; दोळे तांबडेच जावप, सुजप बी; • **ophthalmology (n)** नेत्रविज्ञान; दोळे आनी दोळ्यांच्या पिडांचो अभ्यास; • **ophthalmologist (n)** दोळ्यां-वैज.

opiate (adj) अफू आशिल्लो; गुंगेचो; • **(n)** अफू आशिल्लें वखद; • **(v)** वखद दिवन शांत करप.

opine (v) मत दिवप; मत परगटावप; समज करून घेवप; • **opinion (n)** मत; भावार्थ; ग्रह; समज; □ सल्लो; • **opinion poll (n)** (घो) ओपिनियन पोल; लोकमत; जनमत कौल.

opium (n) अफू.

opponent (n) विरोधक; □ प्रतिपक्षी; □ वैरी; दुस्मान.

opportunity (n) संद; योग्य वेळ; म्हूर्त; • **opportune (adj)** योग्य वेळार केल्लो; फावो त्या वेळावयलो; • **opportunist (n)** संद सादपी; तत्व सोडून संदीचो फायदो उपटावपी (व्यक्ती).

oppose (v) विरोध करप; विरोधांत दवरप; आड वचप; • **opposite (adj)** विरुद्ध दिशेक आशिल्लो; तोंडामुखार आशिल्लो वा फाटीक फाट लावन आशिल्लो; विरोधी; आड; प्रतिकूल; उरफाटो; • **opposition (n)** विरोध; दुस्मानकाय; वैर.

oppress (v) (लोकाक) छळप; पिडप; जुलूम करप; दगदगावप; • **oppressed (adj)** पिडिल्लो; ग्राशिल्लो; जाचो छळ जाता असो; जाचेर जुलूम जाता असो; • **oppressor (n)** अत्याचार करपी; जुलमी; छळपी.

opprobrious (adj) (भास) अपमानाची; निंदा करपी; सवपी; कुच्छित्री; • **opprobrium (n)** अपेस; अपकीर्त; दाग; खत; काळें; नांवाचो इबाड; अशें जावपाचें कारण.

oppugn (v) दुबाव परगटावप; दुबाव घेवप; विरोध करप; आड वचप.

opt (v) पसंत करप; (पर्याय) वेंचप; मान्यताय दिवप; • **opt out (v)** वांटो घेवचो न्हय अशें थारावप.

optician (n) ओक्लां, चश्मे करपी, विकपी, दुरुस्त करपी बी; • **optical (adj)** दिश्टीसंबंदीत वा जें पळयता ताचे संबंदीत; • **optics (n)** प्रकाशविज्ञान; दोळ्यांसंबंदीत शास्त्र.

optimism (n) आशावाद; घडटा वा घडटलें तें बरें वा बऱ्यापासत अशी धारणा; बरें जातलें असो भावार्थ; • **optimistic (adj)** आशावादी.

optimum (n) (उदरगतीक, वाडीक) बेस बरी परिस्थिती; आदर्श, बऱ्यांत बरी तडजोड; • **optimal (adj)** बेस बरो; चड बऱ्याचो; सर्वोत्तम.

option (n) निवड; वेंचपाचें स्वातंत्र्य;

• optional (adj) (अभ्यासाचो विशय) सक्तीचो नव्हय असो; जाय जाल्यार घेवपाचो; आपणाले इत्सेचेर आधारून आसा असो.

opulent (adj) गिरेस्त; श्रीमंत; गिरेस्तकायेन उपाट; □ चकचयाळ; विपूल.

opus (n) संगिताची रचना.

oracle (n) शाणोसूर्तो बुदवंत मनीस; जाच्या तोंडांतल्यान देव वदता अशें मानतात असो मनीस; □ दैवाक प्रसाद पाकळी लावपाची सुवात (आदल्या काळांत); कौल.

oral (adj) तोंडी; उलयल्लें (उतर); तोंडांतल्यान घेवपाचें (वखद); • (n) तोंडी परिक्षा.

orange (n) संत्र; मोसबी; सोन्नारींग; □ नारिंगी रंग; • orange peel (n) संत्राची साल.

orangutan (n) एक लाब हातांचो वानर (वनमनीस).

oration (n) प्रवचन; अलंकारीक व्याख्यान; उपचारीक उलोवप; • orator (n) सुंदर भाशण दिवपी; जाका वक्तृत्वकला सादल्या असो, बरो वक्तो; • oratory (n) वक्तृत्व कला; व्याख्यान दिवपाची कळागी; □ प्रार्थना-घर; लहान खासगत कपेल; देवळी; देवा-कूड.

orb (n) पृथ्वीगोल; आकाशमंडळ; • (v) वाटकुळो जावप, करप.

orbit (n) गिऱ्याचो भोंवडे-मार्ग; परिभ्रमण कक्षा; □ वातावरण; वावराचें मळ.

orchard (n) पोरसूं; वयेंधितल्ली फळबाग, बागायत.

orchestra (n) बरडलो वाद्यवृंद; संगिताच्यो कार्यावळी दिवपी बरड पंगड.

orchid (n) चकचकीत फुलां दिवपी एक फुलझाड; ह्या झाडाचें फूल; □ विटको जांबळो रंग.

ordain (v) इगर्जेतल्या विधींउपरांत पाद्री जालो अशें मानप; दिक्षा दिवप; □ धाराव; फर्मावप; आज्ञा करप; कायदो करप.

ordeal (n) सत्वपरिक्षा; दिव्य.

order (n) अधिकाऱ्याचो हुकूम; आज्ञा; □ म्हालाखातीर मागणी; □ नितळ अवस्था (जाग्याची); □ रीत; पद्धत; शिस्त; □ मांडणी; बंदोबस्त; □ सुवेवस्था; □ पयशे फारीक करपासंबंदान मागणी-पत्र; □ अनुक्रम; वर्ग; वर्गण; पंगड; संप्रदाय; • (v) आज्ञा करप; फर्मावप; नेमप; मागोवप; मागणी करप.

ordinal (adj) क्रम दाखोवपी (संख्या : पयलो, दुसरो, तिसरो वी).

ordinance (n) वटहुकूम; अध्यादेश.

ordinary (adj) सादो; सामान्य; सुमाराचो; नित्याचो; वेव्हारांतलो; चालंत; □ उणाक; हलको; सकयल्या पांवड्याचो.

ordination (n) दिक्षादान; पाद्रीपणाची दिक्षा; □ आज्ञा.

ordnance (n) सरकारी दारुगुल्याची कोठी; शुजासायित्य; तोफखानो; □ ordnance factory (n) शुजासायित्य तयार करपाची फॅक्टरी.

ordure (n) शेण; लूत; विश्टा; □ पोजडो भास.

ore (n) खणींतलें कच्चें खनीज; मीन; मिनाफातर.

oread (n) (ग्रीक पुराणांत) पर्वतकन्या; पर्वतपरी; पर्वत-देवी; गिरीदेवता.

organ (n) कुडीचे आंग; अवयव; इंद्रिय; □ संस्थेचें मुखपत्र; □ पियानोभाशेन एक बरड वाद्य; वाजोवपाची पेटी; • organic (adj) अवयवांसंबंदीत; □ प्राण्यांपासून जाल्ले (सारें), सेंद्रीय; कृत्रीम सारें वापरनासतना काडिल्लें (पीक).

organdie (n) (घो) ऑरगंडी; एक पातळ मलम कशें लुगट.

organism (n) जीव वा वनस्पत; अवयव आशिल्ली कूड; संघटीत शरीर-रचना; □ संघटीत संस्था; यंत्रणा.

organization (n) संघटणा; संस्था; मांडावळ; यंत्रणा; बांदावळ; एकवट; • **organize (v)** संघटीत करप; मांडणेन आटापप; घडोवन हाडप; जाग्यार घालप; आकार, रुपकार दिवप.

orgy (n) धुमशेण (पियेवन बी कांडिल्लें); हैदोस.

oriel (n) गवाक्ष; उजवाडापासत वणटीक आशिल्लो बुराक.

Orient (n) पूर्वेकडले देश (जपान, चीन बी); • **orient (n)** पूर्व; उदेंत; • **oriental (adj)** उदेंतेकडलो; उदेंतेच्या प्रदेशांतलो.

orientation (n) नव्या अनवळखी वातावरणाकडेन जुळोवन घेवपासंबंदी म्हायती; • **orientation course (n)** मार्गदर्शक पाठ.

orifice (n) रंद्र; छिद्र; चील; मूख.

origin (n) उत्पत्ती; उद्गम; मूळ; □ आरंभ; □ कूळ; वंश; □ कारण; • **original (adj)** मुळावो; पयलो; निजाचो; अस्सल; पुर्विल्लो; आदलो; • **(n)** मूळप्रत; • **originate (v)** आरंभ करप, जावप; उपजप; सुरू जावप; अस्तित्वांत येवप.

ornament (n) (नटूंक, सजूंक, शृंगारूंक वापरचेली) वस्त; अलंकार; देखाव्याची वस्त; □ दागिनो.

ornate (adj) सजयल्लो; नटयल्लो; कंगरखिशीन सोबयल्लो; □ फुलार उतरांची, अलंकारीक भाशेन रचिल्लें (बरप).

ornithology (n) पक्षीविज्ञान; शेवण्यांसंबंदीत अभ्यास.

orology (n) पर्वतविज्ञान.

orphan (n) अनाथ; आवय बापूय नाशिल्लें भुरगें; पोर; • **orphanage (n)** अनाथाश्राम; अनाथालय; माया-घर.

orthodox (adj) परंपरावादी; रुढिवादी; सनातनी; धर्म, चालींसंबंदान चलत आयलां तेंच खरें आनी बरें मानपी; □ शास्त्राचेर बोट दवरपी.

orthography (n) शुद्धलेखन.

orthopaedics (n) अस्थीरोग विज्ञान; विकलांग चिकित्सा.

oscillate (v) झेलप; हालप-धोलप; हेवटेन-तेवटेन लकप; • **oscillation (n)** आंदोलन; कंपन; स्पंदन.

osier (n) न्हंयच्या कांठावयले लवे (हांच्या वेतांच्यो मांदऱ्यो, पाटल्यो बी करतात).

ossify (v) हाड जावप; हाडाभाशेन घट, निर्जीव जावप; □ कठोर जावप.

ostensible (adj) (लग्नाचो बी थाट) वयलेचाराचो; दाखोवपाचो; उखलापो; तथाकथीत; वैभवाचें प्रदर्शन करूंक केल्लो.

ostentation (n) लोकांक दाखोवंक केल्लो थाट-माट; गाजघडघड; प्रदर्शन; देखावो.

osteopathy (n) अस्थिचिकित्सा.

ostium (n) रंध्र.

ostler (n) घोड्यांची उस्तवारी काडूंक नेमिल्लो मनीस.

ostracize (v) बहिश्कार घालप; समाजाभायरो करप; वर्गणाभायर घालप.

ostrich (n) शहामृग.

other (adj) दुसरो; हेर; आनीक; वरकड; वर्चील.

otiose (adj) बेकार; आळशी; आलमपेड्डेर.

Ottoman (n) तुर्की; तुर्कस्थानी.

ouch (int) हाय!

ounce (n) एक वजनाचें माप; ओंस (= 28.35 ग्राम); • **(adj)** थोडेंशें;

इल्लें.

oust (v) पदभ्रष्ट करप; सत्तेवयलो देंवोवप; काडून उडोवप; धांवडावप; भायर घालप.

out (adv) भायर (घरांतल्यान, पेटेंतल्यान बी); उकत्यार; ◻ पयस; ◻ स्पष्टपणान; • **(adj)** बाद; मेकळो; रद्द जाल्लो.

outbid (v) दुसऱ्यापरस चड लांस घालप; चड मोल दिवचें करप; दुसऱ्याचेर मात करप.

outboard (n) बोट, विमान वा दुसऱ्या खंयच्याय वाहनाची भायली वट.

outbrag (v) बडायो, तालां मारपांत दुसऱ्याक फाटीं घालप.

outbreak (v) अचकीत सुरू जावप; अकस्मात फुटाणा येवप; • **(n)** (पिडा, झुंज बी) अचकीत सुरू जावचेली घडणी.

outburst (n) उचांबळाय; भावनांची स्फोट; ओग; (हाशाची बी) खळखळ.

outcast (adj) घराभायर घाल्लो, घर-दार नाशिल्लो; उबंत.

outcaste (adj) जातींतल्यान भायर घाल्लो; वर्गणांतल्यान भायर घाल्लो.

outclass (v) दुसऱ्यापरस वयलो पावडो गांठप; मात करप; फाटीं घालप.

outcome (n) परिणाम; फळ; निष्कर्ष; निष्पत्ती; उपज.

outcry (n) रागाची आड्डणी, बोंवाळ; कलकलाट; निशेधाची आरड.

outdated (adj) चालत नाशिल्लो; पोरणो; आज चलना असो.

outdistance (v) फुडे सरप; फाटीं घालप.

outdo (v) (दुसऱ्यापरस) मुखार सरप; मात करप.

outdoor (adj) घरांत भितर व्हय असो; दाराभायलो; घराभायलो; • **outdoor games (n)** उकत्यावयले खेळ; • **outdoors (adv)** उकते सुवातेर; घराभायर; मेकळे हवेंत.

outer (adj) भायलो; वयलो; ◻ भायल्यान दिसता तो; • **outer space (n)** पृथ्वी भायलें अंतराळ; • **outermost (adj)** सामको भायलो; सामको निमाणचो.

outfit (n) सामुग्री; मुस्तायकी; सायित्य; सणापरबेचें न्हेसण; ◻ (थळावें) संघटण; पंगड.

outfitter (n) दर्जी; शिपी; कपडे विकपी, प्रसाधन सायित्य विकपी.

outflow (v) भरून भायर व्हांवप.

outgoing (adj) भायर वचपी; घर सोडून वचपी; (अधिकाराच्या जाग्यावयल्यान) निवृत्त जावपी.

outgrow (v) (दुसऱ्यापरस) बेगीन वाडप; बेगीन ऊंच जावप; केल्लें कपडे आंगाक बसनात अशी वाड जावप.

outhouse (n) घराभायलें लोज.

outing (n) पासय; मौजेपासत (पिकनिकेची) भोंवडी.

outlast (v) तगप; चड काळ (एकादरी वस्त) चलप; उपकरप; चड वेळ उरप.

outlaw (n) गुन्यावगार; उंवाळेल्लो; पळून लिपून जियेवपी, कायदेशीर अधिकार वगडावन बशिल्लो.

outlay (n) खर्च; मोडिल्लो दुडु.

outlet (n) भायर वचपाची, घालची वाट; तुंबाचें तोंड; पळवाट; ◻ बाजारपेठ; ◻ ओगाक करून दिल्ली वाट.

outline (n) भायली वट दाखोवपी आकृताय; थोड्याच उतरांनी केल्लें वर्णन; रुपकार; संक्षेप.

outlive (v) दुसऱ्यापरस चड काळ जियेवप; व्यक्ती वा घडणुके उपरांत वांचून उरप.

outlook (n) धारणा; नदर; ◻ फुडार;

मुखावयली परिस्थिती.

outlying (adj) पयस; शारापासून भायर; शिमेवयलो.

outmoded (adj) आज चलना तसलो; फाटले मोदीचो.

outnumber (v) संख्येन हेरांपरस चड आसप; हेरांक संख्येचे नदरेन फाटीं घालप.

out-of-date (adj) आयज चलना तसलो; पोरणे रविशेचो.

out-patient (n) हॉस्पिटलांत तपासून घेवंक येवपी पिडेस्त (जो हॉस्पिटलांत उपायापासत रावना).

outpost (n) शिमेवयलें मेट.

outpour (v) भरून भायर ओतप.

output (n) उपज; उत्पादन; कारखान्यांत तयार जाल्लो म्हाल; फैदास.

outrage (n) जबरदस्ती; जुलूम; हिसपाभायर आगळीक; हिंसा; बलात्कार; मुददम केल्ली आडकरणी; • **(v)** आगळीक करप; घालो घालप.

outright (adv) स्पश्टपणान; मेकळेपणान; दाखय-लिपयनासतना; जंयचे थंय; □ पुरायेन; सगल्या सगलो.

outset (n) आरंभ; सुरवात.

outshine (v) (दुसऱ्यापरस) चड चकचकप; चड नामना जोडप.

outside (n) भायली वट; भायलो भाग; • **outsider (n)** भायलो; तिरायत; परकी; • **(adj)** पंगडाभायलो.

outsize (adj) वेगळ्याच आकाराचो; खूब व्हडलो (आंगाक व्हड जाता असो कपडो बी).

outskirts (n) शाराभायली सुवात; सराद; शीम; शिमेभायलो वाडो.

outsmart (v) शेराक सवायशेर जावप.

outspoken (adj) स्पश्ट उलोवपी; स्पश्टवादी; सरळ; मेकळ्या सभावाचो; दिसता तें सांगपी; □ फटकळ.

outstanding (adj) हेरांपरस ऊंचाय गांठिल्लो; श्रेश्ठ; असाधारण; असामान्य; चड बरो; उठाव; उठून दिसपी (गूण); □ बाकी, येणी (रक्कम); □ जाचो निर्णय जावंक ना असो (प्रस्न).

outstay (v) थारिल्ल्या वेळापरस चड काळ रावप, उरप.

outstep (v) शीम हुपप.

outstrip (v) दुसऱ्यांपरस चड वेगान वचप.

outvote (v) दुसऱ्यांपरस चड मतां मेळोवप; दुसऱ्याक चड मतांनी हारोवप.

outward (adj) भायर वचपी; भायलो; □ वयलेचाराचो; उखलापो; • **outwards (n)** भायलें रूप; • **outwardly (adv)** भायल्यान; पळोवंक गेल्यार; दिसूंक.

outweigh (v) (दुसऱ्यापरस) वजन वाडप; भार वाडप; चड प्रभाव जावप.

outwit (v) शेराक सवायशेर जावप; □ शिंगां लावप; □ दुसऱ्यापरस अदीक चलाख जावप.

oval (adj) तांतयां आकृतायेचो; लंबवर्तुळाकार.

ovary (n) बीजकोश.

ovation (n) दबाज्याचो येवकार; गाजघडघडान केल्लें स्वागत, भोवमान; (ताळयो बी मारून दिल्ली) शाबासकी.

oven (n) (घो) ओवन; सानन-धांकणो; □ खोर्न; आगटें.

over (n) (घो) ओवर (क्रिकेटीची) • **(adv)** वयर; वयल्यान; सोंपिल्लो; • **(prep)** वयर; पेल्यान; दुसरेवटेन; • **(adj)** खूब; चड.

overact (v) (अभिनयांत, वागपांत) अतिताय करप.

overage (adj) लागू पिरायेपरस जाणटो.

overall (n) चोगो (घरांत काम करतना बायल वापरता तो); • (adj) एका पोंतावयल्यान दुसऱ्या पोंतामेरेनची (लांबाय); एकांदर; □ समस्त; पुराय; • (adv) सगलें मेळून; • **overalls** (n) कारखान्यांनी बी कामगारांनी वापरपाचीं नेसणां.

overawe (v) भेश्टावप; कांचवेवन सोडप; धसको घालप.

overbalance (v) तोल वचून लकप; पडप.

overbear (v) भार घालप; वजन घालप; चेपप; (दुस्मानाक) मार दिवन उडोवप; दुसऱ्यापरस भारी जावप; • **overbearing** (adj) आपलेंच चलोवपी; माथ्यार बसपी; आंगार पडपी; उर्मट.

overboard (adv) होड्यांतल्यान; बोटींतल्यान.

overbold (adj) अती धीट; चड मुबेज.

overbook (v) सीट आमा ताचेपरस चड तिकेटी विकप.

overbridge (n) रस्त्यावयल्यान, रेल्वे लायनी वयल्यान वचपी पूल.

overburden (v) चड भार वा ताण घालप; (भारन, दुस्खान) चेपून वचप.

overcast (v) कुपनी धापप; सावट पडप; दमट जावप; • (adj) कुपाळ; दमट (वातावरण).

overcaution (n) अती चत्राय; गरजेपरस चड जागरुकताय.

overcharge (v) (वस्तूक) चड दर लावप; चड मोल घेवप; म्हारग विकप; • (n) अती मात्रा.

overcoat (n) (घो) ओवरकोट; कोटार घालपाचो व्हडलो लांब कोट.

overcome (v) (दुस्मानाचेर) जैत जोडप; हार घालप; □ (मनांतलो ओग) दामून दवरप; तावो दवरप; □ (अडचण, संकश्ट) हुपप; बालांडप; □ (भयाचो) पगडो बसप.

over-confidence (n) अर्तावस्वास; • **over-confident** (adj) फाजील विस्वास बाळगुपी.

overcrowd (v) खेट करप; गचमुड्डी जावप; चड गर्दी जावप.

overdo (v) कितेंय प्रमाणाभायर करप; अती करप; शीम हुपप; □ चड शिजोवप.

overdraft (n) (घो) ओवरड्राफ्ट; बँकेंत जमा आसात ताचेपरस चड पयशे काडपाची सूट.

overdue (adj) जाची फारीक करपाची मुजत जावन गेल्या अशें कितेंय; जें आदीं करूक फावतालें तें; जाका कळाव जाला अशें; जाची मुजत सोंपल्या अशें.

overeat (v) भकप; पोट फुटसर खावप.

overflow (v) उपाट भरून वावप; उतराळी वचप; • (n) ओतो; हुंवार.

overfry (v) करपप.

overgrow (v) (झोपां, वाली बी) चड वाडप; वाडून सावट घालप.

overhaul (v) (इंजीन बी) विसकळावन सगी करप; दुरुस्ती करतना सगलें यंत्र उसोवन परत घडोवप.

overhead (adv) वयर; तकलेवयर; ऊंचायेर; माळयेर; मळबार; • **overhead expenses** (n) वरकड खर्च (भाडें, पगार बी).

overhear (v) (दुसरे उलयतात ती गजाल) चोरून आयकप; कानार पडप; आपसूक आयकूंक येवप.

overjoyed (adj) चड धादोशी; जाचे खोशायेक सर्त-शीम ना असो.

overleaf (adv) (पुस्तकाच्या) पानांचे फाटले वटेन.

overload (v) चड भार घालप; चड

म्हाल भरप; • (n) पेलूंक जाता ताचेपरस चड वजन.

overlook (v) ऊंचायेवयल्यान खाला पळोवप वा सकयलो देखावो दिसप; □ उवेखप; विसरप; दुर्लक्ष करप; माफ करप; पळयनाशिल्ले भाशेन करप.

overnight (adv) गेल्ले राती; रातयांत; रातींत; थोड्या काळाभितर; • (adj) रातचो; राती वेळार उपकर पडपी; राती वेळार जावपी; गेल्ले रातीचो.

overpay (v) दिवंक जाय ताचेपरस चड फारीक करप.

overpower (v) चोराक बी (आंगार घुरी घालून) धरप; घट धरप; □ ताबो मेळोवप; • **overpowered with grief** दुख्खांत पुराय बुडिल्लो; दुख्खाच्या ताब्यांत गेल्लो.

overrate (v) प्रत्यक्षांत आसा ताचेपरस मोलादीक मानप; फावता ताचेपरस चड मोल, मान दिवप.

overreact (v) गरजेभायर खर प्रतिक्रिया परगटावप.

overrule (v) वरिश्ठान कनिश्ठ अधिकाऱ्याचो निर्णय रद्द करप; बालांडप; बातील करप.

overseas (adj) दर्यापलतडचो; परको; परदेसी; • (adv) दर्यापलतडी; परदेसांत.

oversee (v) देखरेख करप; नदर दवरप; • **overseer** (n) देखरेख दवरपी; निरिक्षक.

overshoot (v) (विमानान) धांवपट्टे वयली थांबचेली शीम हुपप.

oversight (n) नदरचूक; घाळ राविल्ल्यान घडिल्ली चूक.

oversimplify (v) गंभीर प्रस्न भाशणबाजी करून कांय न्हय जाल्लेभाशेन मांडप; सोप्या उतरांचो वापर करून एकादरी समस्या किकोत करप (चूक रुपांत मांडप); प्रस्न गंभीर आसतना उतरांनी सादो कसो भासोवप.

oversleep (v) चड न्हिदप; वेळार उठनासतना रावप.

overspend (v) थारायल्ले परस चड खर्च करप; तांकीपरस चड मोडप.

overstay (v) रावपाचें थारायल्लें ताचेपरस चड काळ (दुसऱ्यागेर बी) रावप.

overstep (v) मर्यादिभायर वचप; घालून दिल्ली शीम हुपप.

overstrain (v) चड ताण, भार घालप वा घेवप; पुरो जायसर काम करप; • (n) अती ताण.

overt (adj) स्पश्ट; उकतो; उगडापो; गुमानीत न्हय असो; सगल्यां मुखार केल्लो.

overtake (v) (फुडें वतल्याची) फाट धरप; गाडी चलयतल्यान मुखार वतले गाडयेक कूस मारून फुडें सरप; □ (दुर्दैव) फाटीक लागप.

overthrow (v) उमथो उडोवप; मातयेभरवण करप; सत्तेभायरो करप; (n) (घो) (क्रिकेटींतलो) ओवरथ्रो – हाका लागून आनीक धांवड्यो काडप शक्य जाता.

overtime (n) (घो) ओवरटायम; कामाच्या वेळाभायर केल्लें काम; ह्या कामाचो मुशारो; • (adv) कामाच्या वेळाभायर.

overture (n) संगितिकेचो पूर्वरंग; गीतनाट्य सुरू जावचेपयलींचें संगीत; • **overtures** (n) इश्टागत जावची म्हण उलोवण्यांची सुरवात वा उलोवण्यांखातीर प्रस्ताव; संकेत.

overturn (v) गाडी बी उमथून पडप; उमथप.

overwhelm (v) ताणाखाला चेपून वचप; चेपप; □ (दुस्मानाक) चिड्डून, चेपून उडोवप; □ भावनेन आकूळ-पिकूळ

जावप; • **overwhelming (adj)** जबरदस्त; जाका तोंड दिवप कठीण असो; निवारण करूंक येना अशें (संकश्ट); • **overwhelming majority (n)** भारी भोवमत.

overwork (v) चड काम घेवप; यंत्र चड चलोवप; तांकीभायर काम करप; • **(n)** अती श्रम.

oviparous (adj) तांतयां घालपी.

owe (v) देणें वा देवें आसप; फिणांत, पागेंत आसप; लागणूक जावन आसप; • **owing to** कारणाक लागून.

owl (n) घूण; घुगूम; नातूक.

own (adj) (आपले) मालकीचो, स्वताचो • **(pron)** आपली लोक; नातेवांगीं; • **(v)** (किनेय) हकाचें, स्वताचें म्हणून आसप; आपलो म्हणून मान्य करप; □ कबूल करप; चूक मानून घेवप; • **owner (n)** धनी; मालक; • **ownership (n)** धनीपण; मालकी हक; स्वामित्व.

ox (n) बैल; गोरूं.

oxide (n) (घो) ऑक्साायड; प्राणवायू आशिल्लें तत्व.

• **oxidization (n)** प्राणवायूकडेन संयोग; • **oxidize (v)** प्राणवायूकडेन एकजीव जावप; □ कळप्येवप.

oxygen (n) (घो) ऑक्सिजन; प्राणवायू.

oyster (n) कालूं; • **oyster shell (n)** शिपी.

ozone (n) (घो) ओझोन; एक वायू; दर्याचें रसरशीत वारें.

•

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
635

P p

P p रोमी अक्षरमाळेचें सोळावें अक्षर.

pabulum (n) खाण; खावड; अन्न; • **mental pabulum (n)** चिंतपाक खावड; अध्यात्मीक चिंतन.

pace (n) पावल; चांट; दांग; धेंप; □ दांगेमदलें अंतर; चलपाची वा धांवपाची गती; • **(v)** पावली मारिल्लेभाशेन सवकास चलप; गणयत चलप; □ धेंपांनी अंतर मापप; • **pace-maker (n)** गतिकारक; □ शर्यतीचे गतीचें नियमन करपी मनीस वा वाहन; □ काळजाच्या ठेक्यांची गती राखपी इलेक्ट्रॉनीक उपकरण; □ नवी कार्यावळ चालीक लावपी संस्था वा व्यक्ती.

pachyderm (n) दाट कातीचें जनावर (हती, घोडो वगैरे); □ मनीस कातीन दाट; कोडगो; शिमरो; निर्लज्ज; जाका उलयल्लें लागना असो.

pacify (v) (राग, उचांबळाय) शांत करप; व्यक्तीक थंडावप; समजावप; देशांत शांतताय स्थापन करप; • **pacific (adj)** शांतिप्रिय; सवस्तकायेचो मोगी; सभावान शांत; □ झगडीं आनी झुजां हांचेपासून पयस रावपी व्यक्ती वा देश; • **Pacific Ocean (n)** प्रशांत म्हासागर; • **pacifism (n)** सवस्तकायेचो आग्रो धरपी मत; हिंसा करूंक फावना असो विचार; राष्ट्रांमजगतचीं किजिलां सवस्तकायेन सोडोवंक जाय अशें मानपी तत्व; शांतिवाद; • **pacifist (adj)** (देश वा व्यक्ती) शांततायेपासत वावुरपी.

pack (n) गठ्ठो; पोटली; चुडी; पुडो; पुडी; बांदिल्लें सामान; □ टोळी; पंगड; □ (नोटींचें) बंडल; □ इस्पिकांचो काट; □ सावदांचो हिंड; • **(v)** सामान बांदप; कवळो बांदप; पोटली तयार करप; वस्तू पोतयेंत वा पेटींत भरप; • **pack off, up (v)** साटली पोटली घेवन चलूंक लागप; पथारी कवळप; • **packed (adj)** गच्च भरिल्लो.

package (n) कित्यांतय बांदिल्ली, गुठलायल्ली वस्त; पोटली; गठ्ठो; पार्सल; बंडल; पुडो; • **package tour (n)** प्रवास कंपनीन आंखिल्ली यात्रा.

packet (n) ल्हान बंडल; पुडी.

pact (n) कबलात; करार; थारावणी; समजणी; • **peace pact (n)** शांततायेचो करार.

pad (n) (घो) पॅड; पातळ गादयेचो कुडको; उशें; घोड्याचें जीन; क्रिकेटीचें पॅड; □ रस्तो; मार्ग; □ दावकूल; • **(v)** पांयांनी चलप; पदयात्रा करप; • **writing pad (n)** बरोवपाच्या फोलींचें पॅड; • **(v)** गादी वा उशांत कापूस

(पॅड) भरप; भरून वाडोवप; • **padding (n)** गादी; गादी वा उश्यांत घाल्लो कापूस वा दाटायेचो मोव जिनस; □ पुस्तकाचीं पानां वाडोवंक बरयल्ल्यो निरर्थक गजालीं.

paddle (n) (घो) पॅडल; वाहनाचें पॅडल; स्नान करतां जो पनेळाचे खुटयेक बांदिल्लो नासता; • **(v)** पॅडल मारून पनेळ ताणप; सवकास ताणप; उकत्या पांयांनी उथळ उदकांत नाचप; उदकांत हात-पांय मारप; भुरग्यासारकें चलप.

paddock (n) घगशेजारची मड्डी (गोरवांक, घोड्यांक वी चरपाक).

paddy (n) भात; धान्य; • **paddy field (n)** शेत.

padlock (n) कलयाद; कुलप; ताळें.

padre (n) (घो) पाद्री; फादर; पुरयत.

paediatrics (n) बाल-रोग विज्ञान; बाल-रोग चिकित्सा; • **paediatrician (n)** भुरग्यां-वैद्य.

pagan (n) क्रिस्तांव, ज्यू वा मुस्लीम धर्मातलो मनीस.

page (n) पुस्तकाच्या पानाची एक वट; पृश्ठ; □ म्हत्वाची इतिहासीक घडणूक; इतिहासाचें पान; □ घरकामाक दवरलेलो भुगो; • **(v)** पानांचेर नंबर घालप.

pageant (n) शोभायात्रा; प्रदर्शन; (सप्ताहांत वी भोंवडायतात ते) पार; सांतांचें पुरसांव; • **pageantry (n)** गाज-घडघडान काडिल्ली मिरवणूक; मिरवणुकेंतले तरेकवार देखावे; चकचक; झगझग.

paginate (v) पुस्तकाच्या पानांचेर नंबर घालप.

pagoda (n) वरडलें बुद्धमंदिर; मिनारांचें मंदिर; देवळ.

pail (n) (लाकडाची वा पत्र्याची) बालदी.

pain (n) कळ; दूख; पिडा; वेदना; यातना; त्रास; दुख्ख; • **(v)** दुख्ख दिवप, जावप; दुखप; दुखोवप; • **painful (adj)** दूखदिणो; • **painless (adj)** दुखना असो; पिडा, यातना दिना, जायना असो; • **pain killer (adj)** (वखद) जें यातना, पिडा, दूख थांबयता अशें; • **painstaking (adj)** कश्टी; मन लावन काम करपी.

paint (n) (घो) पेंट; रंग; रंगाचो लेप; तोंडाक लावपाचो लेप; • **(v)** रंगाचो लेप काडप; रंगोवप; चित्र काडप; □ वर्णन करप; शब्दचित्र बरोवप; • **paintbox (n)** रंगपेट; • **painter (n)** चित्रकार; रंगारी; चित्रीक; □ पनेळ खुट्याक वा होड्याक बांदपाची दोरी; • **painting (n)** चित्रकागाची कलाकृती; चित्र; □ चित्रकला; चित्रकारिता.

pair (n) जोड; जोडी; जोडें; दांपत्य; जोडपें; घोव-बायल; • **(v)** जोडी करप; • **pair of tongs (n)** चिमटो; • **pair of scissors (n)** कातर.

pal (n) इश्ट; वांगडी; सांगाती.

palace (n) पालास; महाल; राजभवन; राजवाडो; • **bishop's palace (n)** बिस्मसायबांची पालास; • **palatial (adj)** पालाशीभाशेन; राजवाड्याभाशेन.

palanquin, palankeen (n) पालखी; लालखी; माचूल; डोळी.

palate (n) खोपो; □ सुवाद; रूच; • **palatable (adj)** सुवादीक; रुचीक; □ बरें लागता तसलें; आपल्या चिंतपाकडेन जुळटा तसलें; • **palatal (adj)** ताळवो; खोपयो.

palaver (n) गजाली; रजबल्ल्यो; विचार-विनिमय; • **(v)** झांकड्यो मारप; गजाली करीत रावप.

pale (adj) धवपाण पडिल्लो; निस्तेज;

दुर्बळ; रसणाय वगडायल्लो; फिको; □ जमनींत पुरिल्लो खुटो; □ शीम; सराद; वंय; वंयेभितल्ली सुवात; • (v) धवो पडप; धवपाण पडप; दुसऱ्या मुखार फिको (उणो) पडप.

palette (n) चित्रिकाचें रंगफळें.

palindrome (n) आरतें वा परतें वाचल्यार तेंच जाता अशें उतर वा वाक्य (पत : नयन)

pall (n) सावट; सया; □ थर; □ कायशांवार वा थड्यार घालपाचें लुगट; □ पापसायबाचो चोगो; • (v) नाका-पुरो करप, जावप; वाज हाडप; □ (पोट फुटसर घालून) अतीतृप्त करप; माट हाडप; □ दुबळो करप; • **pallbearer (n)** खांद दिवपी.

pallet (n) सांतरी; तणाची गादी; □ कुमाराची धापी; रंगफळें; यंत्राची गती बदलपी पट्टी.

palliate (v) भार उणो करप; दुख्ख, पिडा उणीं करप; □ गंभीरताय उणी करप.

pallid (adj) धवपाण पडिल्लो; निस्तेज.

palm (n) तळट; तळटायेदें माप; □ माडाचे जातीचें एक झाड; ताड; खाजराचें झाड; □ जैताची कुरू म्हण ह्या झाडाचें चुडीत; • **Palm Sunday (n)** रामांचो आयतार (पासकां उपरांतचो आयतार); • **palm off (v)** इबाडिल्ली वा चलनाशिल्ली वस्त फटोवन खपोवप; • **palm oil (n)** पाम ऑयल.

palmist (n) हात पळोवन फुडार सांगपी; हस्तसामुद्रिक; • **palmistry (n)** हात पळोवन फुडार पारखुपाचें गिन्यान; हस्तरेखाशास्त्र.

palpable (adj) जाका स्पर्श करूंक येता असो; इंद्रियांक जाणवता असो; स्पश्ट; उगडापो.

palpitation (n) काळजाचो कलकल; खपखप; धडधड; • **palpitate (v)** कलकलप; खपखपप; धडधडप.

palsy (n) अर्धांगवायू; आर; • **(adj)** आर जाल्लो; अचकूल.

paltry (adj) सामको उणो; तुच्छ; किरकोळ; चिल्लर.

pamper (v) चड अपुर्बाय करप; वाट लावप; 'निळू' करप (निळू म्हजो निळू, घर जळ्ळ्यार जळूं!).

pamphlet (n) पुस्तिका; चालंत विशयाचेर बरयल्लो निबंद (पुस्तकरुपी).

pan (n) (घो) पॅन; तव्याभाशेन मुठीचें आयदन; तवो; कायल; लोखणें; □ तागडेचें दालें; □ मिठागराची कुणगी; • **pancake (n)** पानको; • **(v)** भांगर आशिल्ली माती धुवन भांगराचे कण वेगळावप; • जैतवंत जावप; • **(adj)** अखिल; सगळो.

panacea (n) सगल्या पिडांचेर गूण दिवपी वखद; रामबाण वखद.

pancreas (n) अग्निपिंड; (जाचेपासून जिरवणेक मजत जाता; रगतांत इन्सुलीन पावता).

panda (n) आंस्वेलाभाशेन एक जनावर; (मूळ चिनी).

pandemic (adj) सगल्याक पसवल्ली (पिडा).

pandemonium (n) धुमशेण; बोवाळ; कलकलाट; जंय मारामारी चलता, हुयेली बी मारतात अशी सुवात वा प्रसंग.

Pandora's box (n) (ग्रीक) अशी पेट जी उकती करनाफुडें मनीसकुळयेक छळपी विघ्नां भायर सरलीं; असो प्रस्न जो सोडोवंक वचत जाल्यार हजार विघ्नां उबीं करता.

pane (n) दार वा जनेलाचो हारसो; आदूफ; आंतेपाराच्या फळ्याचो खण; • **(v)**

जिनसांवार रंगाचे कुडके एकठावन वस्त्र शिंवप; गोजडी शिंवप; □ जनेलाक हारशे लावप.

panegyric (n) (बरोवन वा उलोवन केल्लो) तुस्त; तोखणाय; स्तोत्र; बिरूद.

panel (n) खाशेल्या वावरपामत मेमिल्ल्या, वेंचून काडिल्ल्या जाणकारांची नामावळ; तज्ञांचो (ज्यूरीज, वैद्य वी) पंगड; □ दागची फळी वा खण; चित्रां आशिल्ली लांब फळी; चौकट.

pang (n) यातना; कळ; (भुकेचे) वळवळे; मनोव्यथा; एकसुरपणानें दुखप; • **pangs of separation** वियोगाचें, ताटातुटीचें दुखप.

panic (n) जिवाचो आकात; अचकीत दिशिल्लो भय; भयान जाल्ली गुळो; सुटिल्लो कलकल; • **(v)** भेशटावप; भयान कलकलावप; □ भियवप; भयान तावो सुटप; • **panicky, panick-stricken (adj)** भयान आकातून गेल्ली; जाचो आवसो उडला असो.

pannier (n) जनावराचे फाटीर दोनूय वटानी पाटी हुमकळायतात तातलें एक.

pannikin (n) वाटो; पेलो.

panoply (n) सूजाऱ्याचें आंग पुराय धापपी कवच; सर्वांगकवच; पुराय राखण दिवपी वस्त.

panorama (n) देखावो; चोयवटांनी दिसता तें दृश्य; (सिनेमाभाशेन) दोळ्यामुखार चलत रावपी गजाल.

pant (n) दम; धाप; खरस; • **(v)** दम, धाप, खरस लागप; धापेत (कितेय) सांगप; □ लालेवप.

pantheism (n) सर्वेश्वरवाद; देव सगल्याक वसता अशें मत; • **pantheist (n)** सर्वेश्वरवादी; • **Pantheon (n)** एकादऱ्या पंथाच्या समस्त देवांचें देवळ; • व्हड मनशांची अंत्यसंस्काराची सुवात; स्मारक-भवन.

panther (n) बिबटो वाग.

pantile (n) अर्दवर्तुळाकार नळा; कोनवांशाचो नळो.

pantomine (n) परिकथेचेर आधारिल्लें मूकनाट्य; □ असल्या नाटकांनी काम करपी नट; • **(v)** कुरवांनी, नदरेन कमलीय गजाल सांगप; □ मूक अभिनय करप.

pantry (n) घरातलीं जेवणाखाणाचें जिनस, आयदनां वी दवरपाची कोठी; कोठये-कूड; • **pantryman (n)** रांदपी; रांदप्याक मजत करपी कोठयेकार.

pants (n) (घो) पैट; कलसांव.

pap (n) भुरग्याखातीर, पिडेस्लाखातीर केल्लें सत्व.

papacy (n) पापसायबांसंबंदीत अधिकार, सरकार, कचेरी, कार्यकाळ वी; • **papal (adj)** पापसायबाचो; पापसायबांसंबंदीत; • **papist (n)** पापसायबांचो अनुयायी.

papaya (n) पोपाय; • **raw papaya (n)** गोळ.

paper (n) (घो) पेपर; फोल; कागद; □ खबरांपत्र; नेमाळें; □ (परिक्षेची) प्रस्न-पत्रिका; • **paper pulp (n)** कागदाचो लगदो; • **paper tiger (n)** कागदी वाग; फकत गरड घालपी मनीस; • **papyrus (n)** दर्याकांठचें एक झाड जाचेपासून आदल्या काळार कागद करताले; अशा कागदार बरयल्लें बरप; • **paperback (n)** कागदाचें वेश्टण आशिल्लें पुस्तक.

par (n) बराबरी; सरासरी; समतळ.

par value (n) दर्शनी मोल.

parable (n) उकशमा; दृश्टांत; नीतकथा; बोधकथा.

parabola (n) पेल्ल उडयतना जाता तसलें तिरकस अर्दवर्तूळ; परवलय.

parachute (n) (घो) पॅरशूट; विमानांतल्यान खाला देंवपाची सत्री; अंतराळ-सत्री.

parade (n) (घो) परेड; सैन्याची, शिपायांची कवायत; कवायतीचें प्रदर्शन; • **(v)** सैन्याक, शिपायांक रांकेन व्हरप; रांकेन वचप; □ वैभव दाखोवप.

paradigm (n) देख; पत; नाट; रुपकार; दृश्टांत.

paradise (n) सर्ग; सासणाचें सूख मेळपाची सुवात; आनंदधाम; □ आनंद; सूख.

paradox (n) विरोधाभासाचें विधान; सरळ अर्थाचें उरफाटें उलोवप.

paraffin (n) (घो) पॅरफीन; एके तरेचें मेण; मेणवाती करूंक वापरपाचो चिकचिकीत पदार्थ.

paragon (n) आदर्श; नमुनो; अपरूप वस्त; देखदिणी व्यक्ती वा गजाल.

paragraph (n) (घो) पॅरा; पॅरग्राफ; बरपांतली खिस्त; परिच्छेद.

parallel (adj) समांतर; दोनांमदीं सारकें अंतर आशिल्लो; सामको सारको; एकासारको; जुळटो; • **(n)** अक्षांश रेखा; □ समान व्यक्ती वा वस्त; समानताय; सारकाय; तसलीच दुसरी व्यक्ती वा वस्त; तुळा; बराबरी; • **(v)** तुळा करप; बराबरी दाखोवप.

parallelogram (n) समांतरभूज चौकोन.

paralyse (v) गती थांबप; थांबोवप; बंद पडप; □ आर मारप; अर्धांगवायू जावप; □ लोळो जावप; गुळंकार जावप; • **paralysis (n)** आरीचें; अर्धांगवायू; पक्षाघात; □ लोळो; गुळंकार जाल्ली अवस्था; कांयच करूंक येना अशी मानसीक अवस्था.

paramilitary (adj) निमलस्करी; उपसैनिकी.

paramount (adj) चड म्हत्वाचो; सर्वोच्च; मुखेल; सर्वश्रेष्ठ.

paranoia (n) आपणाक कोण तरी छळटा अशें तकलेंतलें पिशें; फाटीक कोण पूण लागला अशी भावना.

parapet (n) कट्टो; पारो; पुलाची धड.

paraphernalia (n) सगली सामुग्री; साटली-पोटली; साज; लवाजमो; लवंडर.

paraphrase (v) दुसऱ्या उतरांनी सांगप; भावानुवाद करप; सोप्या उतरांनी मांडप.

parasite (n) दुसऱ्याच्या आधारार, रगतार पोसपी जीव वा वनस्पत; पराश्रयी; परावलंबी मनीस; □ बेनल्ल; बांडगूळ; □ लांबटो.

parasol (n) सत्री (खासा करून बायलांची).

paratrooper (n) विमानांतल्यान सत्री फुलोवन देंवपी सैनीक; • **paratroops (n)** विमानांतल्यान सत्रो फुलोवन देंवपी सैन्य.

parboil (v) मातसो उकडप; अर्दकुटो शिजोवप; □ सळसळावप.

parcel (n) (घो) पार्सल; कित्यांतूय गुठलायल्ली वस्त; गठ्ठो; ल्हान पोटली; बंडल; • **(v)** वांटे करप; गठ्ठो बांदप.

parch (v) मातसो भाजप; तळसप; वतांत वाळगुवप; सुकोवप.

parchment (n) चर्मपत्र; बरोवंक वा रंगोवंक कमायल्लें चामड्याचें पान.

pardon (n) भगसणी; माफी; क्षमा; • **(v)** भगसणी दिवप; माफी, क्षमा करप; • **pardonable (adj)** (गुन्याव) भगसुपासारको.

pare (v) (रूख) वडसप; कडो कातरप; वांकडी-तिकडी वस्त कापून, कातरून सोबीत

करप; □ कल्लावप; सोलप.

parent (n) आवय, बापूय; जनक; • **parents** (n) आवय आनी बापूय; वडील; □ कित्याचेंय मूळ जाचेपासून दुसऱ्याची उत्पत्ती जाता; • **parent organization** मूळ वा वडील संस्था; • **parentage** (n) घराणें; कूळ; वंश.

parenthesis (n) कंस; वाक्यांत वापरचेली कुरू ( ); कंसांतली उतरां.

parish (n) (घो) पॅरीश; इगर्जेखालचो वाटार; • **parish priest** (n) विगार; इगर्जेचो पाद्री; पुरयत.

parity (n) बराबरी; सारकाय; समता; समानताय.

park (n) उकतें मळ; मोटार बी तत्पुरतो वेळ दवरपाची सुवात; □ वाडली बाग, भोंवपाचें उद्यान; □□ गाडपाची सुवात; • (v) थावोवप; दवरप; • **parking place** (n) वाहना उबीं करपाची वा काय वेळ दवरपाची सुवात.

Parkinson's disease (n) जातूत सादे धरतात आनी कूड लाडलडटा असली पिडा.

parlance (n) उलोवपाची रीत; बोली.

parley (n) वादाच्या विशयाचेर पक्षांमदीं भाशाभाश; चर्चा; □ समेटाचीं उलोवणीं; • (v) समेटाचीं उलोवणीं करप.

parliament (n) (घो) पार्लमेंट; संसद; • **Parliament House** (n) संसद भवन.

parlour (n) घरातली बसपाची, गजाली बी करपाची कूड; (हॉटेलांत बी) बसका घेवपाची कूड; (घो) पार्लर.

parochial (adj) फिरगजेपुरतो; वाटारापुरतो; पंगड्यापुरतो; □□ संकुचीत वृत्तीचो; मोटवे नदरेचो; • **parochialism** (n) संकुचीतताबाद; संकीर्ण वृत्ती; आपल्या गांवापुरतें, प्रदेशापुरतें चिंतप; • **parochial school** (n) धर्मसंस्थेची शाळा (क्रिस्तांव).

parody (n) दुसऱ्यान बरयलां ते धर्तीर बरोवन केल्ली मस्करी; साहित्य विदर्ण.

parole (n) उतर; वचन; भास; □ बरे चलणुकेचें उतर घेवन ख्यास्त भोगतल्या गुन्यावगाराची केल्ली तत्पुरती सुटका; हे सुटकेचो काळ.

paroxysm (n) रागाचो, हांशाचो ओग; □ भार; अवसर; □ मोडणें.

parquet (n) लाकडी तिजुऱ्यांची जमीन; फळ्यांचो तळ.

parricide (n) बापायची, आवयची वा लागींच्या नातेवर्गियांची हत्या; अशी हत्या करपी व्यक्ती; □ देशद्रोह; देशद्रोही.

parrot (n) कीर; पोपट; कंठेर; किरांटी; □ किराभाशेन उलोवपी मनीस; • (v) किराभाशेन उलोवप; किरावप; दुसऱ्याभाशेन बडबडप.

parry (v) (धपको) चुकोवप; वाटावप; □□ (प्रस्न) टाळप; □ (संकश्टाचें) निवारण करप.

parse (v) वाक्य वा उतराची व्याकरणी फोडणिशी करप.

parsimonious (adj) चड काटकसरी; □ किरपण; चामटो.

parson (n) पाद्री; विगार; • **parsonage** (n) पाद्रीची रावतिका.

part (n) अंश; कुडको; भाग; वांटो; खिस्त; □□ नाटकांतलें काम; सवंग; □ प्रदेश; प्रांत; • (v) त्यागप; सोडप; वांटप; वांटे करप; वेगळावप; वेगळो जावप; • **part time** (adj) थोड्या वेळापुरतो; दिसाच्या थोड्या भागापुरतो; मुखेल वेळांत करपाचो न्हय असो (वावर).

partake (v) भागी जावप; वांगडी जावप; वांटेकार जावप; वांटो घेवप.

partial (adj) पक्षपाती; एके वटेन रावपी; □ जो पुराय न्हय असो; थोडोसो; अर्दकुटो; वांट्याचो.

participant (n) भाग, वांटो घेवपी; • **participate (v)** भाग; वांटो घेवप; सहभागी जावप; भागी जावप; • **participation (n)** वांटो; सहभाग.

participle (n) धातूविशेशण.

particle (n) कण; कणी; कुसकूट.

particular (adj) अमकोच; खाशेलो; खेरीज; विशेश; □ शिटूक; बारिकसाणेन नदर दवरपी; • **(n)** कसलीय एक गजाल; • **particulars (n)** बारीक-सारीक म्हायती ; तपशील; फोडणिशी; विस्तारान वर्णन.

parting (n) निरोप; ताटातूट; प्रस्थान; पयसावणी; □ (मार्गाची बी) वांटणी; □ केंसाचो मागो; • **(adj)** निरोपा वेळेचो.

partisan (adj) पक्षपाती; समर्थक; एकादरी बाजू घेवन रावपी.

partition (n) वांटणी; फाळणी; वेगळावणी; विभाजन; □ मदलो पारो; पड्डो; □ (वेगळो) खण.

partly (adv) मातसो; वांट्यान; • **(adj)** थोडोभोव; वांट्याचो.

partner (n) भागी; भागीदार; वांटेकार; सांगाती; • **partnership (n)** (धंद्यांतली बी) भागीदारी; भागी; सांगात; वांटो.

parts of speech (n) शब्दवर्ग; उतरां-जाती.

party (n) (घो) पार्टी; राजकी पक्ष; □ खाणा-जेवणाचो मेळ; पार्टी; □ वांटेकार.

pass (n) (घो) पास; घळ; दोंगरांमदली अशीर पायण; खिंड; □ मार्ग; रस्तो; वाट; □ (परिक्षेंत बी) येस; □ (रेल्वेचो, नाटकाचो बी) पास; • **(v)** पास जावप; पास करप; येस जोडप; □ मुखार सरप, वचप, चलप; व्हांवप; बालांडप; • **passable (adj)** वचूंक मेळटा असो (रस्तो); वाटावपा येत असो; □ पास करपासारको; • **passage (n)** पायण; पांयवाट; देवळांतली सरवळी; □ चाल; □ तार; □ (वेळाचें) वचप; उलगण; □ मंजुरी; मान्यताय; □ लेखांतलो वांटो; • **passenger (n)** (घो) पॅसेंजर; वहानांतल्यान वचपी प्रवासी, यात्रिक; पयणारी; • **passer-by (n)** वाटेन वचपी; • **passing (adj)** खिणयाळो; कांय काळापुरतो; वयलो-वयलो; वतां-वतां केल्लो; • **(n)** मरण; वचप.

passion (n) नाद; पिशें; चॅट; ओग; वानसा; • **the Passion (n)** जेजूचे मरणापयलींचे वळवळे; • **passionate (adj)** (भाशण) नेटान केल्लें; भावनेक हात घालपी; ओगान भरिल्लें; □ (मनीस) रागिश्ट; भावनावश; रोखडोच आकूळ-पिकूळ जावपी; अळार येवपी; तापपी; भुलपी; मुरगुटपी.

passive (adj) मोन्यानी सोंसपी; विरोध करिना असो; मेंगो; हात पांगरून बसपी; सुस्त; घडटा तें पळोवपी; • **passively (adv)** मोन्यानी; मान खाला घालून; • **passivity (n)** निश्क्रियता; • **passive resistance (n)** हिंसेविरयत प्रतिकार; • **passive voice (n)** कर्मणी प्रयोग.

passkey (n) मुजरत घडयल्ली, जाय त्या कुलपाक लागपी चावी.

passport (n) (घो) पासपोर्ट; परकी देसांत वचूंक सरकारान दिल्लें मान्यताय-पत्र.

password (n) कुरवेचें उतर; संकेत-शब्द.

past (n) आदलो काळ; फाटलो काळ; फाटल्यो बऱ्यो वायट करण्यो; इतिहास; • **(adj)** आदलो; पुर्विल्लो; करून जाल्लो;

• (adv) आदीं; लागसून; • (prep) पेलो; • past tense (n) भूत काळ.

paste (n) (घो) पेस्ट; खळ; चिकटी; गोम; लेप; मलम; • (v) खळ लावप; (पत्रक बी वणटीक) दसोवप; • pasteboard (n) फोलीर फोल दसोवन केल्लो खड्डो.

pastel (n) रंगीत खडू वा लाप्स; रंगीत खडवान काडिल्लें चित्र; • pastel colour (n) लेव रंग.

pasteurize (v) दुदाचेर बी निर्जंतूक करपाची प्रक्रिया करप (तापोवप बी).

pastille (n) (ताळो खोरजता ताचेर) चोखपाची गुळी.

pastime (n) मनरिजवण; मनोरंजन; वेळ मौजेन सारूंक केल्लें कितेंय.

pastor (n) धर्माधिकारी; धर्मासबदान मार्गदर्शन करपी; पाद्री.

pastry (n) (घो) पेस्ट्री, केक, बिस्कुत्यो बी मैद्याचीं खाणां.

pasture (n) चरव; तण; पालय बी; □ चरवा-मळ; गोरवाक चरपाचें ठिकाण.

pasty (n) पॅटीस, कचोरी, मोदक बी पात्यातलें खाण; • (adj) चिकचिकीत.

pat (n) कौतुकान, अपूर्वायेन फाटीर मारिल्लें थापट; □ थापटी; कौतुकाचें, तोखणायेचें उतर; □ थापटून केल्लो लोणयाचो बी गुळो; □ थापटिल्ल्याचो आवाज; • (v) अपूर्वायेन, कौतुकान फाटीर थापट मारप; हातानी थापटप; • (adj) आवडीचो; जिस्त तोच; तयार; • (adv) वेळ वगडायनासतना; रोखड्यारोखडो.

patch (n) कपी; थिगळ; कुडको; □ भुंयेची कुणगी वा कुडको; • (v) कपी मारप; झगडें पासप; गांठावप; जोडप; • patchwork (n) कशीतरी गांठायल्ली वस्त; कपयो मारिल्ली वस्त; □ कपयाळें; गोजडी; □ वणटीचेर बी केल्ली कपच्यांची कंगरखीस.

pate (n) तकली; माथें; बोड; मत (बुद्ध).

patent (n) (घो) पेटंट; एकादरी वस्त तयार करूंक आनी विकूंक मेळिल्लो अधिकृत अधिकार; • (adj) स्पश्ट; उकतो; सगल्यांक खबर आशिल्लो.

paterfamilias (n) (विनोदान) घराण्याचो वडील; जाणटेलो.

paternal (adj) बापायवटेनचो; बापायभाशेन; • paternal grandmother (n) आजी; (बापायची आवय); • paternal uncle (n) बापोलयो; • paternity (n) पितृत्व; बापूयपण.

path (n) घोळिल्ली वाट; पांयवाट; □ तरा; मार्ग; रीत; • pathfinder (n) (रानांत) वाट सोदून काडपी; पयलीं वचपी; वाट दाखोवपी; • pathway (n) पायण; पांयवाट; घोळिल्ली वाट.

pathetic (adj) काकूटवाणो; चुरचुऱ्याचो; चुरक्याचो; कळवळ्याचो.

pathogen (n) पिडेक कारण जावपी जीव.

pathology (n) रोगविज्ञान; पिडा-रोगांसंबंदींचें शास्त्र.

pathophobia (n) पिडे-भंय; आपणाक पिडा जाल्या वा जातली अशें खूळ.

pathos (n) कळवळो; चुरको; करुणा.

patience (n) सोंशीकपण; सोंसणिकाय; सहनशक्ती; धीर; कळ सोंसपाची तयारी; शांती; • patient (n) धिराचो; सोंशीक; सोंसणिकाय आशिल्लो; थंड; शांत; □ चिवट; □ जाचेर वैजकी उपाय चलतात असो पिडेस्त; वायटकार.

patio (n) आंगण.

patriarch (n) घराण्याचो जाणटेलो; □

(क्रिस्तांवांचो) बिशपसायब; □ सगल्यांत वयस्क व्यक्ती; जाणटो; • **patriarchal (adj)** पितृसत्ताक; जातूंत बापायक घराब्याचो मुखेली मानतात अशी (चाल).

patrician (adj) कुळवंत; व्हड घराण्यांतलो.

patricide (n) बापायची हत्या; बापायची हत्या करपी.

patrimony (n) बापायवटेनचें दायज, येरांस.

patriot (n) देसभक्त; देसमोगी; • **patriotism (n)** देशभक्ती; देसमोग; राष्ट्रप्रेम.

patrol (n) पारो; पाळत; तेळणी; भोंवडी राखण; रोंद; गस्त; □ राखणदार; गस्त घालपी; • **(v)** तेळणी करप; पाळत दवरप; गस्त घालप; पाऱ्यार रावप.

patron (n) आलाशिरो दिवपी; आश्रयदातो; फाटबळ दिवपी; □ कलाकार, संगितकार आदींक दुडवांचो आधार दिवपी; □ नित्याचें गिरायक; • **patron saint (n)** राखण दिवपी संत; • **patronage (n)** आलाशिरो; दुडवांचें फाटबळ; आधार; छत्र; □ सासाय; • **patronize (n)** आलाशिरो; आधार दिवप; सदांच गिरायक घालप.

patten (n) ऊंच खोटांची खडाव (चिखलाक पांय लागचो न्हय म्हण वापरपाची).

patter (v) प्रार्थना बी सडसडीत, अस्पश्ट म्हणप; (चालीचो) टपटप आवाज येवप; (पावसाचो) टपटप आवाज जावप; • **(n)** जाची तांकांच समजुचेली भास; दुसऱ्याक समजुची न्हय म्हणून रचिल्ली आपसांतली बोली; □ गिताचे बोल.

pattern (n) देख; पत; नमुनो; नाट; □ आकृताय; रचणूक.

paucity (n) उणाव; तूट; फाल्तूर.

paunch (n) सुटिल्लें पोट; धोन.

pauper (n) कंगाल; दळदिरो; खांकनवाळ; जाच्यान पोट भरूंक जायना असो.

pause (v) (कितेंय करतना) मातसो थांबप; रावप; विसव घेवप; • **(n)** खीणभर विसव; थांबणी; इल्लीशी उसरपत.

pave (v) (वाट) मेकळी करप; (चलपाक) सोपें करप; □ एकतळ करप; तळार करप; • **pave the way (v)** रस्तो तयार करप; मार्ग निवळ, मेकळो करप.

pavement (n) फातरी मांडिल्ली पांयवाट; □ पांयवाट; पासय; फुटपाथ.

pavilion (h) माटव; मंटप; तंबू; □ खेळामळावयली खेळगड्यांक बसपाची कूड.

paw (n) दावकूल; बचकूल; • **(v)** दावकूल लावप; दावकुलान खरपप; □ जनावरान फुडल्या खुरांनी जमीन उस्तप.

pawn (v) घाण दवरप; जायां दवरप; • **(n)** बुद्धीबळांतलो पेदो; (दुसऱ्याच्या हातांतलें) बावलें; दुसऱ्याच्या तालार नाचपी व्यक्ती; • **pawnbroker (n)** वस्तू घाणाक घेवन रीण दिवपी.

pay (n) पगार; पाग; वेतन; □ वावराचें मोल; मुशारो; दिसवडो; रोजी; • **(v)** फारीक करप; रीण फारीक करप; पानवळ भोगप; • **payee (n)** जाका पयशे फारीक करूंक जाय तो; • **payer (n)** जो पयशे फारीक करता तो; पयशे भरपी; • **pay order (n)** (घो) पे ऑर्डर; फारीक करपाचो आदेश दिवपी चीट; • **pay roll (n)** कामार आशिल्ल्यांच्या नांवाची वळेरी; पगार घेतल्यांची नोंद-पटी; • **paymaster (n)** धनी; पगार दिता तो; • **paying guest (n)** खाजगी घरांत रावपी (विद्यार्थी बी); • **payment**

(n) पयशे दिवप, भरप; पुरस्कार; □ ह्यास्त.

pea (n) वाटाणो चणो; मटार.

peace (n) शांती; सवस्तकाय; थंडाय; झुजापासून मेकळीक; • **peaceful** (adj) सवस्तकायेचो; शांततायेचो; जंय कलकलाट ना अशी (सुवात); शांत; थंड (वातावरण); • **peacemaker** (n) शांती स्थापूंक वावुरपी व्यक्ती; किजिलां पालोवपी; वितुश्ट मेटोवपी व्यक्ती; • **peacetime** (n) शांततायेचो काळ; झुज ना असो काळ; • **peace of mind** (n) मनोशांती; मनाची सवस्तकाय.

peach (n) एक रसाळ फळ; □ हळडुवो गुलाबी रंग; • (v) चाडयो सांगप.

peacock (n) मोर; • **pea-chick** (n) मोगचें पील; • **pea-fowl** (n) मोर वा मोरीण; • **pea-hen** (n) मोरीण; • **peacock blue** (n) मोरपाखी निळो रंग.

peak (n) तेंगशी; तेमूक; मुळको; माथो; कळस; शिखर; □ सगल्यात ऊंचले तोंक; □ पराकाश्टा.

peal (v) एका बरावर घांटी वाजप; घाटी घणघणप; • (n) घांटीचो घणघण; एकासारक्यो घांटी घणघणिल्ल्याचो नाद.

peanut (n) मसमी-भिकण; भुंयमूग.

pear (n) सफरचंदाभाशेन एक फळ; ह्या फळाचें झाड; □ निवलकांडें.

pearl (n) मोतीं; • **pearly** (adj) मोतयांभाशेन.

peasant (n) गांवगिरे मनीस; शेतकामती; भूंय कसपी शेतकार; किसान; • **peasantry** (n) शेतकामती लोक; शेतकार वर्ग.

pebble (n) गुळगुळीत गुंडो; फातर.

peccable (adj) पातक करपाची वज आशिल्लो; पातकांत पडपी.

peck (v) चोंच मारप; चोंचीन उबारप; □ लक्ष दिनासतना खावप; • (n) चोंचीचो घांस; • **pecker** (n) चोंच मारपी पक्षी; • **woodpecker** (n) मेस्त (पक्षी).

pectoral (adj) हड्ड्यासंबंदीत; छातयेचो (स्नायू वी); • (n) हड्ड्यावयलें कवच, वस्त्र वी.

peculate (v) विस्वासान दवरूंक दिल्लो दुडू हातासप.

peculiar (adj) अपरूप; आगळो-वेगळो; विचित्र; विक्षिप्त; विलक्षण; □ निजाचो; खाशेलो; • **peculiarity** (n) खाशेलपण; □ वेगळेपण; विचित्रताय.

pecuniary (adj) दुडवांसंबंदीत; दुडवांचो; अर्थीक; □ (गुन्याव) दुडवांचो दंड पडसारको.

pedagogy (n) शिक्षणशास्त्र; अध्यापन-कला; • **pedagogical** (adj) शिक्षणासबंदीत; शिक्षणशास्त्रासंबंदीत; • **pedagogue** (n) शिक्षक.

pedal (n) (घो) (सायकलीचें, शिवणयंत्राचें वी) पेंडल; पेदाल; पांय-दांडो; • (v) पेदाल मारप; पांय मारीत चलोवप.

pedant (adj) पुस्तकांत बरयलां ताका चड म्हत्व दिवपी; आपले जाणवायेची बडाय मारपी; तत्वां सांगपी; विद्यागर्वी; खूब शिकला पूण शिकिल्लें पचोवंक नाशिल्लो (शिक्षक).

peddle (v) भोंवन वस्तू विकप; □ नसत्या कामांनी वेळ वगडावप; □ इल्लें-इल्लें दिवप; • **peddler** (n) फेरीवालो; भोंवन वस्तू विकपी.

pedestal (n) जाचेर पुतळो वी दवरतात ती ऊंच बसका; जिचेर खांबो उबारतात ती ऊंचाट; □ऊंचल्या अधिकाराचें पद,

आसन.

pedestrian (n) चलपी मनीस; चलून वचपी मनीस; वाटसूर; पदयात्री; • **(adj)** निरस; पचपचीत; • **pedestrian crossing (n)** चलून वतल्यांखातीर खाशेली वाट (रेल्वे रूळ बालांडूंक बी).

pediatrics (n) बाल-रोग विज्ञान; बाल-रोग चिकित्सा; • **pediatrician (n)** भुरग्यां-वैज.

pedicel (n) देंट; □ देंटाभाशेन अवयव.

pedicular (adj) उयांक लागून जावपी; उयांनी भरिल्लें (माथें).

pedicure (n) पांयांचेर उपचार; □ पांयांचो शृंगार; नाखटां रंगोवप.

pedigree (n) वंशावळ; वंशरूख; □ वंश; कूळ; □ जनावराची जात; विरी; □ उतराची व्युत्पत्ती.

pedlar (n) फेरीवालो; □ आयकीव गजाली गांवभर पातळावपी; • **drug pedlar (n)**गुंगे वखदां विकपी.

peduncle (n) देंट; फुलाचो वा फळाचो देंट.

peek (v) चोरून पळोवप; उडटी नदर मारप; नियाळ घेवप.

peel (n) साल; कल्ल; कपचो; खवळी; • **(v)** फळाची साल काडप; सोलप; कल्लावप; □ खवळी काडप; खवळी सुटप; □ कपचो काडप, पडप.

peep (v) खांचींतल्यान, बुराकांतल्यान पळोवप; चोरून पळोवप; नदरेक पडप; दिश्टी पडप; अंधूकसो दिसप; • **(n)** तकली घालून पळोवप (कृती); □ पयलें दर्शन; उदय; उदेव; फांतोड.

peer (n) तोलामोलाचो मनीस; समाजांत कोणायलागीं बराबरी करीत असो मनीस; • (इंग्लंडांत) सरदार, नवाब बी; • **(v)** बारिकसाणेन पळोवप; प्रयत्न करून पळोवप (धुक्यांत बी).

peerless (adj) तुळा करूं नजो असो; जाचेसारको दुसरो ना असो; सगल्यांपरस व्हडलो.

peevish (adj) पिरंगणो; फडफडो; झगडाळ; रोखडोच तापपी; धोंसपी; कर्कश.

peg (n) कितेंय हुमकळावपाची वणटीची खुटी; तंबूची दोरी बी बांदपाचो खूट; पिपाचें तोंड बंद करपाची गुड्डी; दात्याची खुटी; • (घो) पेग; ल्हान पेलो कशें माप (सोऱ्याचें); पेगभर सोरो; • **(v)** खुटयेक हुमकळावप, बांदप.

pelf (n) (उणाक अर्थान) धन-दौलत; दुडवांची जोड.

pelican (n) (घो) पॅलिकन पक्षी; पाणकोळी; उदकासरीं रावपी व्हडले रुंद चोंचीचो आनी पार्तीं कशा पावलांचो पक्षी (हाच्या गळ्यांत खाल्लें नुसतें दवरपाची पोती आसता).

pellet (n) गुळी (पिठाची, वखदाची, मातयेची बी); कागदाची गुठली; आर्माचे मुनिसांव.

pell-mell (adv) गोंदळान; घुसपागोंदळान; हांगा-थंय.

pellucid (adj) निर्मळ; निवळ; निगूत; चक्क; जांतल्यान पेलें दिसना असो; पारदर्शक.

pelmet (n) (घो) पॅल्मेट; पड्ड्याची दांडी लिपोवंक केल्ली लाकडाची आडावणी.

pelt (n) ल्हंव आशिल्लें मेंढराचें वा बोकडाचें चामडें; • **(v)** (फातर बी) शेवटून मारप; मोखप; शिवर घालप; □ पावस नेटान पडप (फातर पडिल्लेभाशेन); गुळयांचो मारो करप; • **(n)** मोख; शिवर; नेट; गती.

pelvis (n) कमराकडलो भाग; होंट; नितंबभाग.

pen (n) गोरवां, बोकडांचो गोठो; कौंबयांचो घूड; □ रेवडायल्ली सुवात; • हांयस (मादी); □ (घो) पेन; लिखणी; □ बरोवपाचो वेवसाय; बरोवपाची शैली; • (v) गोठ्यांत वा रेवडायल्ले सुवातेर बंदिस्त दवरप; □ बरोवप; • **pen-friend** (n) पत्र-मित्र; (घो) पेन-फ्रेंड; • **penknife** (n) लहान चाकू; कानवेत; • **pen-name** (n) बरोवप्याचें (साहित्यीक) अडे-नांव.

penal (adj) कायद्यान मांगिल्ले सयास्तीसमवेत; सयास्त लावपाचो; • **penal code** (n) दड-संहिता; • **penal law** (n) दडविधी; • **penalize** (v) सयास्त लागू करप; दड घालप; • **penalty** (n) (कायदो मेम मोडिल्लेपासत) सयास्त; दड; • **death penalty** (n) मत्युदड.

penance (n) तपस्या; तप; आत्मनिग्रह; □ प्रायश्चित; निगचीत; केल्ल्या पातकाचे पानवळ भोगप.

penchant (n) आवड, गोडी; रूच; चेट.

pencil (n) (घो) पेन्सील; लाम; • (v) लामसान बरोवप; नोंद करप; रिमकावप; • **blue-pencil** (v) सपादीत करप; गरजेभायलें कापून उडोवप.

pend (v) निवाड्याची वा प्रस्न सुटपाची वाट पळोवप; विचाराधीन आसप.

pendant (n) गळ्यातलें सरपळचे लॉकेट.

pendent (adj) हुमकळपी; लोंबकळपी; वांकल्ली, वाकवल्ली (वनस्पत); □ निवाडो जावचो आसा असो (खटलो); अनिर्णीत.

pendulate (v) झोपाळ्याभशेन फाटीफुडें सरप; झेलप; धोलप; □ फाटीफुडें जावप; धतर-वितर जावप.

pendulum (n) घडयाळीचो लोळो; घटो.

penetrate (v) भितर शिरप; घुसप; प्रवेस करप; मुंगरप; खोल वचून समजून घेवप; • **penetration** (n) शिरा; प्रवेस; □ प्रस्नाचे खरीक वचपाची योग्यताय; बारिकसाण घेवचेली तांक.

penguin (n) (घो) पेंग्वीन पक्षी (दयदिंगेर गावपी, उडूक कळनाशिल्लो अंटार्क्टिक सारकिल्ल्या थंड प्रदेशांतलो पक्षी).

penicillin (n) (घो) पेनिसिलीन; एक वखद.

peninsula (n) द्वीपकल्प; एक सोडून हेर सगल्या वटांनी उदकान रेवडायल्लो प्रदेस; उळवो.

penis (n) दादल्याचें लिंग; शिस्न.

penitence (n) पच्छताप; प्रायश्चित; पिराचीत.

penitentiary (n) सुधार-घर.

pennant (n) घुडी.

penniless (adj) कंगाल; खांकनवाळ; पयसो नाशिल्लो.

penny (n) इंग्लीश पाऊडाचो शंबरावो वांटो; □ चिल्लर नार्णे.

pension (n) (घो) पेन्शन; निवृत्तीवेतन; बमपगार.

pensive (adj) विचारमग्न; चिंतपांत गुल्ल जाल्लो; □ चिंतेस्त; चितूक पडिल्लो; खंती.

pentagon (n) पंचकोन; **the Pentagon** (n) अमेरिकेच्या राखणसात्याचो इमारत; अमेरिकन फौजेचें वहील.

pentathlon (n) पांच कसरती – खुस्ती, भालो-फेक, थाळी-फेक, उडक्यो मारप आनी धांवप.

penthouse (n) (अमेरिकेंत) भोवमजली इमारतीचे माथ्यावयली कूड; □ पास्टाचें पांखें.

penultimate (adj) निमाण्याआदलो.

penumbra (n) गिराणावेळार पडटा ती काळशी सया.

penurious (adj) निर्धन; सामको गरीब; □ कंजूस; • **penury (n)** दळडीर; गरिबी; □ उणाव.

peon (n) (घो) प्यून; कचेरेंतलो उल्याचो मनीस; पायक; नोकर.

people (n) लोक; मनीस; □ जनता; भौस; प्रजा; □ घरचे लोक; नातेवर्गी; • **peoples (n)** लोकाच्यो वेगळ्यो वेगळ्यो जाती, जमाती; प्रांत, देसांक लागून जाल्ले लोकांचे जमे.

pep (n) उमेद; उत्साह; मस्ती; तुतनायक.

pepper (n) मिरयां; • **(v)** मिरयां-पिठो शिपडप (खाणाचेर); (दुस्मानाचेर) फारार फार सोडप; खर ख्यास्त दिवप.

peppermint (n) एक वनस्पत (पुदिना); हिचो अर्क; □ पिपिरमीट.

per (prep) –चे मार्फतीन; –चे कडल्यान; –च्या सांगण्यान; –चे प्रमाण; • **per annum** दर वर्सा; • **percent** दर शेंकड्याक; **percentage (n)** (घो) पर्सेंटेज; प्रतिशती; अंश; वांटो; टक्केवारी; शेंकड्याच्या हिसबान करपाचें गणीत वा दिवपाचें कमीशन बी; • **per bearer** मनशाकडल्यान; • **per capita** मनशा कणकणीं.

perambulate (v) भोंवप; भोंवाडो मारप; पासय मारप; पांय मेकळे करप; □ ठांय-ठांय भोंवप; • **perambulator (n)** बाबागाडी.

perceive (v) लक्षांत येवप; कळून येवप; समजिकाय मेळप; उमजप; पळोवप; नोंद घेवप.

percept (n) मन वा इंद्रियांमार्फतीन आत्मसात केल्ली गजाल; • **perceptability (n)** उमजून घेवपाची तांक; जाण; • **perception (n)** जाण; बोध; उमज.

perch (n) (शेवणें बसता ती) ताळी; ऊंचाटेवयली बसका; पांदऱ्यांतली बसचेली दांडी; □ एक सावें नुसतें; • **(v)** ताळयेर बसप; ऊंचायेर बसप.

percolate (v) पाझरप; पातेवप; गळप; गाळप.

peregrination (n) यात्रा; भोंवडी; प्रवास; पर्यटन.

peremptory (adj) अंतीम; जो मानुंकूच जाय असो; जंय भासाभाशेक सुवात ना असो; निमाणचो; □ (व्यक्ती) कट्टरपंथी; आपलेंच चलोवपी; कोणाक मानिना तसली; □ (हुकूम) जाका पाळो दिलेबगर सुटका ना असो; • **peremptory mandamus (n)** जो मोडूंक फावना असो आदेश वा फर्मान.

perennial (adj) नित्य; सासणाचो; चिरंतन; अक्षय; □ बाराय म्हयने व्हांवपी न्हंय; (वनस्पत) सदांकाळ जियेवपी.

perfect (adj) पूर्ण; परिपूर्ण; दोश नाशिल्लो; उणें नाशिल्लो; आदर्श; देखदिणो; जथापथ; यथायोग्य; □ प्रवीण; फिशाल; □ सामको (मूर्ख) □ (व्याकरणांत) पूर्ण; • **(v)** पुराय करप; दोशविरयत करप; कांय उणें उरचेंना अशें करप; □ फिशाल जावप; • **perfection (n)** दोशविरयत, उणेपण नाशिल्ली अवस्था; परिपूर्ण अवस्था; पुराय विकास; □ फिशालकाय; • **perfectionist (n)** जो परिपूर्णताय सादपाची मोख दवरता तो; प्राविण्यवादी.

perfidy (n) विस्वासघात; घातमारेपण; • **perfidious (adj)** विस्वासघात करपी; घातमारो; घातकी; द्रोही.

perforate (v) बोंथे मारप; • **perforating (adj)** भेदपी; बोंथे करपी.

perforce (adv) जबरदस्तीन; बळान; □ ना सुटकेक; परिस्थितीक लागून; उपाय नासून.

perform (v) (लागणुकेक) पाळो दिवप; (उतर) पाळप; (काम) करप; (धर्मीक कार्यावळ) करप; कार्यान्वीत करप; बरे तेरन संपादप; □ नाटकांत काम करप; अभिनय करप; जनावरांचे बी खेळ दाखोवप; • **performing arts** (n) नाटक, नृत्य आदी माचयेक्यात्यो कला; • **performance** (n) (कार्याचे) संपादन; (लागणुकेक दिल्लो) पाळो; (देवस्पणाचें) कार्य; □ यंत्रान बी काम दिवप; व्यक्तीचें कार्य; □ अभिनय; माचयेर केल्लें काम, सवंग; □ कार्यक्रम; खेळ; प्रयोग.

perfume (n) परमळ; घमघम; सुगंध; □ अत्तर; सेर; • (v) अत्तर लावप; परमळावप; घमघम सोडप; • **perfumery** (n) अत्तरां; अत्तराचो कारखानो; अत्तराचें दुकान.

perhaps (adv) घडये; एकादशें; एकादो वेळेक; कदाचित.

pericardium (n) काळजाभोंवतणचें आवरण.

perigee (n) चंद्र पृथ्वीक सगल्यांत लागीं आसता तो बिंदू.

perihelion (n) गिरो वा धुमकेतूच्या कक्षेचो सूर्याक सगल्यात लागीं आशिल्लो बिंदू.

peril (n) संकश्ट; अदृश्ट; भय; वायटाचो दुबाव; जोखीम; • **perilous** (adj) भयाकूत; संकश्टाचो; अदृश्टाचो; जोखमेचो.

perimeter (n) घेर; आवाठ; भोंवतणची शीम.

period (n) काळ; वेळ; मुजत; □ युग; पर्व; □ (शाळेतल्या अभ्यासाचो) वर्गकाळ; □ पूर्णविराम; • **periodic** (adj) धारावीक काळांचो; नेमान येवपी, जावपी, घडपी; • **periodical** (n) नेमाळें; नियतकालीक; • (adj) नेमान जावपी, घडपी गजाल.

periphery (n) घेर; आवाठ; परीघ; शीम; सरद.

periscope (n) (घो) पेरिस्कोप; खंदकांत भितर वा उदकांत (पाणबुडयेंत बी) आशिल्लो मनीस नदरेपेल्यो वस्तू पळोवंक वापरता तें उपकरण.

perish (v) मरप; मारप; काबार जावप; नाश जावप; □ (वनस्पत, झाड) बावप; सुकप; □ सुकोवप; लासून, जाळून नश्ट करप; • **perishable** (adj) नश्वर; इबाड्टा अशी (वस्त); जी लगचीना अशी; • **perishables** (n) वेगीन इबाडपी वस्तू, फळां, मांस बी.

perjure (v) (खरें उलयतलो म्हणून सोपूत पेवन) फट गवाय दिवप; • **perjurer** (n) तड्डकी गवाय; खोटो साक्षिदार; • **perjury** (n) (खरें सांगतलो म्हणून सोपून पेवन दिल्ली) फट गवाय.

perk (v) वायटा उपरांत (दुर्येक्षा उपरांत) भलायकी सुधारप; उमेद दिसप.

perks (n) पगाराभायर दिल्ल्यो सवलती; • पळ्यात **perquisite.**

permanent (adj) नित्य; धीर; सदांच उरपी; तगपी; अढळ; • **permanence** (n) थिराय; शाश्वती; सदांखातीर केल्ली वेवस्था.

permeate (v) प्रवेश करप; व्यापप; भर दिवप; भिजोवप; ओलो करप; घुसप; पसवप.

permission (n) परवानगी; मान्यताय; मेकळीक; (अमकेंच करूंक) रजा; निरोप; • **permit** (v) परवानगी, मान्यताय, मेकळीक, रजा, निरोप दिवप; □ करूंक दिवप; □ संद दिवप; शक्य करप; शक्य जावप; • (n) (घो) परमीट; परवानो;

सरकारी मान्यताय.

permutation (n) गट करपाखातीर केल्ली क्रमान आशिल्ल्या अक्षरांची, आंकड्यांची वा वस्तूंची अदलाबदल (पत: a, b, c = ab ba ac बी); □ अदलाबदलीन केल्ले गट; □ बदल; रुपांतर.

pernicious (adj) लुसकान करपी; नाशें करपी; भयंकर; घातकी; पाडो; भलायकी इबाडपी (संवय).

perpendicular (adj) नीट उबो; उबें (देगण); (गंवड्याचो) ओळंबो.

perpetrate (v) (गुन्याव, आगळीक, अत्याचार, वांकडें काम) करप, करून बसप, करून मेकळो जावप; • **perpetrator (n)** (अन्याय, अत्याचार बी) करपी व्यक्ती.

perpetual (adj) नित्याचो; सदांकाळचो; सासणाचो; निरंतर; सोंपना तसलो; लागून (सातत्यान) केल्लो; • **perpetuate (v)** सदांखातीर जिवो दवरप; (उगडास); अज्रंवर करप; उगडासांतलो वचचोना अशें करप; चिरस्थायी करप.

perplex (v) कुवाड्यांत घालप; घुसपावप; गोंदळावप; चाळांत, तंदऱ्यांत घालप; समजूंक अवघड करप; गळसणावप; • **perplexed (adj)** कुवाड्यांत पडिल्लो; कितें जालां वा करचें तें लक्षांत येना असो; घुसपल्लो; गळसणून गेल्लो.

perquisite (n) पगाराभायर मेळपी फायदो, जोड; अवांतर येणावळ; □ बक्षिस; इनाम.

persecute (v) धरूंक वा जिवो मारूंक फाटीक लागप; छळप; हालहाल करप; सतावप; फाट धरप; अत्याचार, आगळीक करप; • **persecution (n)** अत्याचार; आगळीक; जुलूम.

persevere (v) यत्न करीत रावप; लागून यत्न करप; सातत्य दवरप; घेतिल्लो वावर घट रावन करीत रावप; • **perseverance (n)** यत्न; उद्देग; धिराय; चिकटाय; धीर; धैर; अचंचळाय; हातांत घेतिल्लें काम तडीक पावसर धेवन बसपाची वज.

persist (v) (विरोध, आडमेळीं आसतना) करीत रावप; घट रावप; दसून रावप; पटोवपाचो यत्न करीत रावप; आग्रो धरप; • **persistent (n)** चिवट; यत्न करीत रावपी; यत्नी; उद्देगी.

person (n) व्यक्ती; मनीस (दादलो वा बायल); जण; □ (मनीस) कूड; देह; काया; □ (व्याकरणांत) पुरुश; • **personable (adj)** दर्शनसंतोश; रुपेस्त; देखणो; सुंदर; गोमटो; • **persona non grata (n)** (दूत म्हणून) अमान्य व्यक्ती; नाका अशी व्यक्ती; • **personal (adj)** आपलो; स्वताचो; खाशेलो; व्यक्तिगत; • **personal effects (n)** व्यक्तिगत, आपलें खाशेलें सामान; • **personality (n)** व्हड मनीस; □ व्यक्तित्व; व्यक्तिमत्व; रूप; □ व्यक्तिची खाशेलकाय; • **personality cult (n)** व्यक्तिपुजा; • **personalize (v)** (गुणांक) मनीस-रूप दिवप; नांव घालून आपलें म्हणून सिद्ध करप; • **personate (v)** (नाटकांतले व्यक्तीचो) अभिनय करप; (लोकांक फटोवंक) बतावणी करप; आपूण अमकोच एक (दुसरी व्यक्ती) म्हणून सांगप; सवंग घेवप; • **personify (v)** (गुणांक, कर्तुबाक) मनीस-रूप दिवप; (गूण) मनीस रुपांतलो अवतार मानप; • **personification (n)** मूर्त अवस्था; मानवी रूप (महात्मा गांधी म्हळ्यार अहिंसेचे मानवी रूप); • **personage (n)** व्हड मनीस; □ (नाटकांतलें) पात्र.

personnel (n) संस्थेंत, कंपनींत काम

करपी सगळे लोक; कर्मचारी.

perspective (n) त्रिमितीदर्शन; जिस्ताजिस्त दर्शन; देखावो; □ कमलेय गजालींच्या वेगळ्यावेगळ्या तासांचो परस्पर संबंद.

perspiration (n) हूम; घाम; • **perspire** (v) हुमेवप, घामेवप; घामान भिजप; घामाघूम जावप.

persuade (v) दुसऱ्याक पटोवप; समज पडत अशें सांगप; तयार करप; राजी करप; खरेपण दिवप; पारासप; भरवसो दिवप; • **persuasion** (n) मन-वळोवणी; मन ओडपाची ताक; समजावणी; समजाविशी; □ पथ; संप्रदाय; धर्म-विचार; □ सिद्धांत; मत.

pert (adj) मस्ती; आडागी; उर्मट; □ सुबेज; फाफारांव.

pertain (v) (कोणाचो बी) लागप; लाग्नीक आसप; संबंदीत आसप, जावप.

perturb (v) बेचैन करप; सस्तताय बगडावप; सतावप; पिकार करप, जावप; • **perturbation** (n) मनाची अशाती, बेचैनी, घालामेल अवस्था; गोंदळ्ळेली आवतिकाय.

perusal (n) मन लावन वाचन; अध्ययन; समजणी; अभ्यास; • **peruse** (v) चित्त दिवन वाचप; सारकें समजप; समजून घेवप; लक्ष लावन पळोवप.

pervade (v) पातळप; पसवप; सगल्याक पावप; बळप.

perverse (adj) विकृत; मुजरत पाडें कर्तूब करपी; दुराग्रही; हटी; आडवाटयो; • **perversion** (n) मुजरत केल्लो अर्थाचो अनर्थ; विकृत करून सांगिल्ली गजाल; फटींची गवाय; विकृताय; • **pervert** (v) वायट मार्गाक लावप; वांकडो उपेग करप; उरफाटो अर्थ लावप; विकृत करप; इबाडप; • (n) विकृती जाल्ली व्यक्ती; आचारभ्रश्ट व्यक्ती.

pervious (adj) जांतल्यान (उदक बी) वचूंक शकता अशी (वस्त).

pessimism (n) निराशावाद; वायट तितलें घडटलें अशें मानप; अशुभ चिंतप; • **pessimist** (n) निराशावादी; बरें जावचेंना अशें चिंतपी व्यक्ती.

pest (n) लुसकान करपी जीव (हुंदीर, वायटी बी); (एका काळावयली) घातमारी पिडा; □ हिंचण; फाट सोडिनाशिल्ली व्यक्ती; • **pestilence** (n) घातमारी, अनर्थ घडोवन हाडपी पिडा.

pester (v) सतावप; त्रास दिवप; नाका-पुरो करप.

pesticide (n) कीटकनाशक; लुसकान करतल्या जिवांक नश्ट करपी वखद.

pestle (n) कांडण; मुसळ; • (v) कांडप; कुटप.

pet (n) पोशिल्लो, चड आवडीचो प्राणी; पोशिल्लें जनावर; □ अपुरबायेचें भुरगें; • (adj) अपुरबायेचो; मोगाचो; • (v) लाड करप; अपुरबाय करप; • **pet name** (n) अपुरबायेन दवरलेलें नांव.

petal (n) फुलाची पाकळी.

peter, peter out (v) कांठार पावचेपयलींच दर्यात ना जावप; ल्हवुल्हवू उणें जायत वचून ना जावप; पुराय जावचेपयलींच समाप्त जावप; अर्द्यारूच सोंपप; सोडचो पडप (खेळ बी).

petiole (n) पानाचो देंट.

petite (adj) नाजूक; माणकुली; जायेसान ल्हान.

petition (n) अर्ज; अर्जी; बरोवन केल्लें मागणें; विनंती; प्रार्थना; • (v) अर्ज करप; बरोवन मागणें करप.

petrify (v) घट फातर करप; घट जावप;

(भयान आसा थंयच) तटास जावन रावप.

petrol, petroleum (n) दिवे पेटोवंक वा गाडयो चलोवंक वापरपाचें खनीज तेल (घासलेट, पेत्रोल, गाजोलीन बी).

petticoat (n) (घो) पॅटीकोट; घागरो; साय.

petty (adj) किरकोळ; किकोत; नगण्य; गणटी नाशिल्लो; □ ल्हान.

petulant (adj) फडफडो; जाका रोखडोच राग येता असो; शिघ्रकोपी; पिरंगणो.

pewter (n) कांशें; कांस्यपात्र.

phagocyte (n) रोगजंतूंआड झुजपी धवी रक्तपेशी.

phalanx (n) हात वा पांयांच्या बोटाचें हाड.

phantasm (n) नाशिल्लें दिसप; भास; भ्रम; भूत.

pharmacy (n) (घो) फार्मास; वखदांचें दुकान; • **pharmaceutical (adj)** वखदां तयार करपासंबंदीत; वखदां विकपी (कंपनी); • **pharmaceuticals (n)** वखदां; • **pharmacology (n)** वखदां-शास्त्र; वखदां तयार करपासंबंदींचें, वखदांच्या गुणांसंबंदींचें शास्त्र.

pharynx (n) ताळो; गळो.

phase (n) अवस्था; (चंद्राची) कळा; दशा; □ पांवडो; जोरगत; □ वांटो; □ विजेची फेझ; • **(v)** वांट्यांनी करप.

phenol (n) (घो) फॅनॉल; एक जबर जंतूनाशक.

phenomenal (adj) अजापाचो; असामान्य; सामान्याभायलो; अपूर्व; □ सैमीक घडणुकांसंबंदींचो; इंद्रियांक जाणवता असो; • **phenomenon (n)** मन वा इंद्रियांक जाणवता अशें घटीत; प्रत्यक्ष घडणूक; नवल; अजाप; अद्‌भूत घडणूक.

phial (n) (वखदाची) ल्हान शिसली.

philander (v) बायलांमदीं रमप; • **philanderer (n)** बायलांडो; बायलांनी रमपी मनीस; मोग-पिसो मनीस.

philanthropic (adj) लोका-बऱ्याचो (वावर); समाजकल्याणाचें (कार्य); लोककल्याणाची (संस्था); • **philanthropist (n)** लोकाच्या बऱ्यापासत वावुरपी; परोपकारी व्यक्ती; • **philanthrophy (n)** मनीसजातीचो मोग; दुसऱ्याक उपकरा पडपाची वज; समाजाच्या बऱ्यापासतचो व्यक्तीकडल्यान वावर.

philatelist (n) टपालाच्यो तिकेटी पुंजावपी; तिकेटींचो छंद म्हणून संग्रह करपी; • **philately (n)** टपाल तिकेटींचो अभ्यास आनी संग्रह.

philologist (n) भाशाशास्त्री; भासविज्ञानीक; • **philology (n)** भाशाशास्त्र; भासविज्ञान; भाशेचो अभ्यास.

philomel (n) बोंचुड्डी; बुलबूल; पिटकोळी.

philosopher (n) तत्वज्ञ; तत्त्वगिन्यानी; दर्शनशास्त्री; □ शांतचित्त; स्थितप्रज्ञ; • **philosophy (n)** तत्त्वविद्या; तत्त्वगिन्यान; दर्शनशास्त्र; □ शांत सभाव; चित्तशांती; □ शाणपण; जाणवाय.

phlegm (n) कफ; धरकल; □ सुस्ती; आळसाय; पर्वा नासप.

phobia (n) भय; भिरांत; कांच; कलकल; • **hydrophobia (n)** उदका-भिरांत.

phoenix (n) (घो) फिनिक्स पक्षी; आख्यायिकेप्रमाण लासून गोबर जालेउपरांत पुनर्जल्म घेतिल्लो पक्षी; अमरपक्षी; नव्या नेटान परतून वयर सरता ती नश्ट जाल्ली वास्तू.

phone (n) (घो) फोन; टेलिफोन; • **(v)** फोन करप.

phonetic (adj) स्वनीक; उच्चारणाचो; उच्चारणासंबंदीत; • **phonetics (n)** ध्वनीविज्ञान; उच्चारणशास्त्र.

phon(e)y (adj) असत्य; लटको; अस्सल नव्हय असो; (दागिनो) नकली; • **(n)** जशी भासयता तशी नाशिल्ली व्यक्ती.

phonogram (n) फोन-तार; पोस्टांत फोन करून धाडिल्ली तार.

phonology (n) भाशेतल्या आवाजांची पद्धत आनी ताच्या बदलाच्या इतिहासाचो अभ्यास.

photo (n) (घो) फोटो; छायाचित्र; • **wall photoframe (n)** पांयजण; • **photographer (n)** (घो) फोटोग्राफर; (वेवसायान) छायाचित्रकार; • **photography (n)** (घो) फोटोग्राफी; फोटो काडप; • **photostat (n)** लेख वा चित्राची फोटो-प्रत.

phrase (n) उतराचे अर्थभरीत गाठले (पूर्ण वाक्य नव्हय); वाक्यातलो अर्थभरीत वाटो; वाक्ययोग; ओपाय; • **(v)** उतरानी मांडप; • **phraseology (n)** उतरा-माडणी; वाक्यशैली; शब्दरचणूक.

phrenetic (adj) तकलेक मद चडला असो; मदांध; खुबळ्ळेलो.

physic (n) वैजकी; दोतोरकी; □ वखद; • **(v)** तपासणी करप; रियेवचेले वखद दिवप.

physical (n) भौतीक; प्रकृतीक; सैमीक; कुडामवंदीत; • **physical chemistry (n)** भौतीक रसायन; • **physical culture (n)** कुडीचो व्यायाम; कसरत; • **physical fitness (n)** कुडीची योग्यताय; • **physical science (n)** भौतीक विज्ञान.

physician (n) वैज; दोतोर; डॉक्टर; पिडेस्ताची तपासणी करपी.

physicist (n) पदार्थ विज्ञानाचो अभ्यासक; पदार्थविज्ञानी; • **physics (n)** पदार्थविज्ञान.

physiognomy (n) आकृतीविज्ञान; तोंडावयल्यान सभाव, फुडार पावपाची विद्या.

physiology (n) शरीरविज्ञान.

physiotherapy (n) वीज, वाफ, मालीश, आमनां हांच्या आधारान उपचार; वखदाविणें उपचार.

physique (n) कुडीचो जायेस; आंगलोट; शरीररचना.

piano (n) (घो) पियानो; पियान.

piazza (n) शारांतलो चौक.

pica (n) छापपाच्या टायपाचो आकार.

pick (v) पुंजावप; वेंचप; खुडप; □ चांच मारप; □ हातासप; □ खुणप; □ दांत कोरताप; • **(n)** वेचून काडिल्ली वस्त, गजाल; बरें वांटो; □ कुदळ; • **pickaxe (n)** पिकास; पिकांदर.

picket (n) खुटो; म्हेड; □ शिपायांचो पगड; □ तेळणी करपी; पाळटेर दवरलेलो शिपाय; मेटावयलो शिपाय; □ निरोधन; धरणें; • **(v)** पाऱ्याक राबप; आडावप (अमकें करूं नाका म्हणून सांगूंक) धरणें धरप.

pickle (n) लोणचें; मिचकूट; • **(v)** (मीठ, विनाग वी घालून) सांबाळून, राखून दवरप.

pickpocket (n) पाकीटमार; लोकाच्या बोल्सातलीं पाकिटां फारावपी; बोल्सांतले दुद्दू चोरपी.

picnic (n) (घो) पिकनीक; मौजेचो भोंवडी.

pictorial (adj) चित्रां आशिल्लो; चित्रांचो; • **picture (n)** चित्र; रुपणें; आकृताय; □ (घो) पिक्चर; फिल्म; सिनेमा; • **(v)** चित्र काडप; वर्णप; • **picture**

house (n) सिनेमा-घर; थिएटर; • **picturesque (adj)** सोबीत देखाव्यांनी उपाट; दोळ्यांत भरपी; सैमान नटिल्लो; □ (भास) दोळ्यांमुखार सोबीत चित्र उबें करपी; • **picturise (v)** फिल्म काडप; सिनेमा तयार करप.

pidgin (n) आपले भाशेंत इंग्लीश उतरां भरशिल्ल्यान घडिल्ली 'खिचडी' भास (मूळ चीनांत).

pie (n) भितर मांस, नुस्तें वा हेर जिनस घालून भाजिल्ली पोळी वा पाव.

piece (n) कुडको; भाग; वांटो; खंड; □ कपो; पोस्त; □ फोड; कूट; • **piece together (v)** कुडके गांठप, जोडप; गांठवल करप; • **piecemeal (adj)** वांट्यांनी; कुडक्या-कुडक्यांनी.

pier (n) पुलाचो खांबो; वणटीचो खांबो (उदकाचो मार आडावंक); कांठार बांदिल्लो बांद; (उदकांतल्यान येवपी म्हाल देंवोवपाचें) ल्हान बंदर; (भोंवंक वचूंक मेळटा असो) धको; जेटी.

pierce (v) तोपप; रोमप; बोंथो घालप; बुराक करप; फापसप; □(कान) तोपप बी; • **piercing (adj)** काळजांत रिगपी; मनाक लागपी; (आवाज) काना-पड्डे फोडपी; कर्कश; □ (शीं, वारें) आंग कातरपी.

piety (n) धर्मनिश्ठा; भक्ती; भावार्थ; अजू चाल; पवित्रताय; निर्मळ वर्तन.

pig (n) दुकर; दुकरा-मांस; • **piggery (n)** दुकरांचो घूड; • **piggish (adj)** दुकराभाशेन; बुरसो; भकारो; अधाशी; • **pigheaded (adj)** हटी; मूर्ख; • **piglet (n)** दुकरा-पील.

pigeon (n) पारवो; कवडो; □ सादो मनीस; अरवळ मनीस; • **pigeon-hole (n)** पत्रां बी दवरूंक वणटीक वा आरमारीक केल्लो खण; • **pigeon-hearted (adj)** भित्रो; फुकफुको; • **pigeon pea (n)** तोरं (दाळ).

pigment (n) रंग तयार करपाक वापरपाचो जिनस; रंगद्रव्य.

pigmy, pygmy (n) (घो) पिग्मी; आफ्रिकेंतल्या गिड्ड्या लोकांची एक जात; सामको गिड्डो मनीस; • **(adj)** सामको ल्हान; नगण्य; किरकोळांतलो.

pike (n) धातूचें तोंक आशिल्लो लाकडी भालो; □ दोंगराचो सुळको; तेमूक; □ जकात घेवपाचें मेट; जकात; मानडबी; म्हासूल; □ एक नुस्तें (टोंकी).

pile (n) तोंक आशिल्लो दांडो; खुटो; □ पुलाचो खांबो; □ रास; दाळ; पुंजो; □ दुडवां-रास; □ व्हडल्या व्हडल्या इमारतींची रस्त; रांक; □ सारी (मेल्ली कूड लासपाची); □ तणाचें कुडें; □ लोंकर; लां; • **(v)** दाळप; राशीर घालप; रास करप; • **piles (n)** मूळव्याध; बीक.

pilfer (v) (किरकोळ वस्तू) सुतलावप; चोरप; मेळटा तें उबारप; • **pilferage (n)** सुतलायल्लो म्हाल; उबारिल्ल्यो वस्तू; • **pilferer (n)** बारीक-सारीक चोरयो करपी; हाताक मेळटा तें उबारपी.

pilgrim (n) तीर्थयात्री; धर्मीक थळांची भोंवडी काडपी; □ हाजी (मक्केक वचून आयिल्लो); • **pilgrimage (n)** तीर्थयात्रा; □ हाजयात्रा (मुसलमानांची).

pill (n) गुळी (वखदाची); **a bitter pill (n)** कोडू गुळी, घोंट; • **(v)** गुळी घेवप (गिळप).

pillage (v) झुजांत लुटप; • **(n)** लूट; लुटमार; • **pillager (n)** लुटमारो.

pillar (n) खांबो; स्तंभ; पेगांव; □ मुखेल आधार दिवपी मनीस; • **pillarlike (adj)** खांब्याखुराचो.

pillion (n) मोटारसायकलीं वयली, घोड्यावयली बी फाटली बसका.

pillory (v) लज काडप; फजेत करप.

pillow (n) उशें; गिर्दनी; • **pillow case (n)** उशाची चिरी; गिवसण.

pilot (n) (घो) पायलट; वाहन चलोवपी; विमान वा अंतराळयान चलोवपी; बोट धक्याक लावपी वा भायर काडपी; □ फुडारी; • **(v)** चलोवप; वाट, मार्ग दाखोवप; फुडारपण करप; • **(adj)** प्रयोगाचो, आरभाचो (खेळ); • **pilot car (n)** वाट दाखोवपी गाडी; • **pilot scheme (n)** पतीपामत पयली येवजण.

pilule (n) गुळी.

pimple (n) मुंबर, पुळी.

pin (n) (घो) पीन; आल्फिनेत; सुवी; सूय; टांचणी; □ खुटी; • **(v)** पीन लावप, तोपप; • **pin-drop silence (n)** किण्ण; किण्ण वातावरण; पुराय शांती; • **pin-point (v)** जिस्त, सारक-बरो वर्णन करप.

pincers (n) चिमटो; गावी; पक्कड.

pinch (v) चिमटो काडप; पिळप; पिवळप; (थंडी वा भुकेन) तळमळप; □ चिमटेत धरप; □ बूट लागप; □ सतावप; चोरप; • **(n)** चिमटो; चिमटी; चिमूट; □ कश्ट; अडचण; संकश्ट.

pine (n) देवदार रूख.

pineapple (n) अनस.

ping-pong (n) (घो) टेबल टेनीस खेळ.

pinion (n) शेवण्याच्या पाखांचो भायलो मादो; पाख; □ दातन्याचे लहान चक्र; • **(v)** पाख कातरप; □ हात बांदून आडावन दवरप; (मनशाक) कमलेय गजालीकडेन बांदून दवरप.

pink (adj) गुलाबी; • **(n)** गुलाबी रंग □ तेमूक; (उदरगतीची) ऊंचली शीम; • **(v)** (तरसाद) तोपप; □ इंजिनाचो आवाज जावप.

pinnacle (n) कळस; घूड; दोंगराचें तेमूक, मुळको; □ अत्युच्च सुवात, स्थिती.

pint (n) पातळ जिनस मेजपाचें एक माप; गॅलनाचो आठवो वांटो.

pioneer (n) नवो वाटार बसयतल्यांतलो पयलो; नवें सोदन काड्टल्यांतलो पयलो; नवो व्याप सुरू करपी; मुखार आसपी; • **(v)** नवें कितेय करपांत पयलो जावप; नवी वाट तयार करप; मार्ग दाखोवपी जावप.

pious (adj) धर्मिश्ट; देवभक्त; भक्तिवंत; देवधर्मी; कर्तव्यदक्ष.

pip (n) सफरचदासारकिल्या फळाची बी; □ (रेडियाचो वा) पिपूपिप् आवाज; □ कोंबयाचो एक रोग; • **(v)** फारान जखमी करप; जैताकडेन पाविल्ल्याक हारोवप.

pipe (n) (घो) पायप; नळ; □ पुंगी; बासरी; पिल्लूक; पेपारे; □ ओडपाचो पायप; गुडगुडी; • **(v)** मुरली वाजोवप; पिल्लूक मारप; □ नळातल्यान पातळ पदार्थ पावोवप; □ गोट लावप; • **piper (n)** पुंगी, मुरली वाजोवपी.

pipette (n) द्रवपदार्थ मेजपाची आनी एकातलें दुसऱ्यात घालपाची नळी.

pipkin (n) मातयेचो वुडकुलो; कैली.

piquant (adj) आंबट-तीख; मसालेदार; मचमचीत; भगभगीत; □ मौजेचो; आगळो; चुरचुरीत; मनोरंजक.

pique (n) चीड; संताप; तिडक; • **(v)** तिडावप; खुबळावप; उचांबळावप.

piracy (n) दर्यातल्या तारवांच्या म्हालाची लूट; चांचेपण; □ साहित्यीक बरपावळीची चोरी; • **pirate (n)** दर्यातलो लुटमारो; दर्या-चोर; चांचो; □ साहित्य-चोर.

pirouette (n) एका पांयार वा पांयांच्या बोटांचेर रावन केल्लो नाच.

Pisces (n) मीन रास.

pisciculture (n) (अडेचो उदका-सांठो करून तांतूंत) नुसतें पोसप; मत्स्यपालन.

piss (v) मुतप; • **(n)** मूत.

pistachio (n) पिस्तो; पिस्त्याचें झाड.

pistol (n) (घो) पिस्तूल.

piston (n) (घो) पिस्टन; यंत्राचो एक भाग.

pit (n) खड्डो; फोंड; नेम; गायर; • **(v)** खड्डो, फोंड खणप; खड्ड्यांत घालप; • **pitfall (n)** (संकश्ट ह्या अर्थान) खड्डो, फोंड.

pitch (n) तंबू उबारपाचो वावर; □ डामर; बिरेव; दीख; □ बाजारांत विकूंक दवरलेल्या म्हालाचें प्रमाण; □ बॉलाची मोख; खेळ-पट्टी; क्रिकेटींत विकेटींचे मदली सुवात; □ ऊंचाय; पांवडो; □ पाश्टाचें पाखें; □ सुराची ऊंचाय; वयलो सूर; सुराची तीव्रताय; • **(v)** डामर सारोवप; काळें करप; □ तंबू ताणप; □ घो करून पडप.

pitcher (n) कळसो; बिंदलो; □ गुलगुलेत; सुरई.

pitchfork (n) तण हालोवंक, विसकटावंक वापरपाची केल्याची बडी.

pith (n) म्होवलो; गरोप; सार; □ बळगें; नेट; □ तवंक.

pittance (n) सामकें उणे पयशे; पोट भरूंक कठीण असो उणो पगार; सामकें उणें उत्पन्न.

pity (n) काकूट; चुरचुरे; चुरको; खंत; अपुर्बुदद; • **(v)** काकूट करप; चुरचुरप; • **pitiable condition (n)** विपश्ट; इपत्त; काकुटेची परिस्थिती.

pivot (n) दारापोंदची खुटी (जिका लागून दार घुंवता); अक्ष; □ म्हत्वाची वा गरजेची व्यक्ती; वस्त; जाचेर यश वा उदरगत आधारून आसा अशी व्यक्ती, वस्त; खांबो (म्हत्वाची वस्त वा व्यक्ती ह्या अर्थान).

pixie (n) अप्सरा; परी.

placable (adj) क्षमाशील; मोवाळ.

placard (n) तकटो; वणटी-पत्र.

placate (v) समजाविशी घडोवप; थंडावप; शांत करप; खुशाल करप.

place (n) स्थान; थळ; जागो; सुवात; प्रदेश; □ गांव; शार; □ रावतिका; ठिकाणें; □ नोकरी; पद; □ पांवडो; □ अवसर; संद; □ बसका; आसन; • **(v)** दवरप; धरप; बसोवप; मांडप; (नोकरेर) नियुक्ती करप; (म्हालाक ऑर्डर) दिवप; (विस्वास, भरवंसो) दवरप; • **place of worship (n)** पूजा-घर; देवूळ; इगर्ज; मशीद बी.

placement (n) (व्यक्तीची) नोकरेर स्थापणूक; नोकरेची तजवीज; • **(v)** नोकरी दिवप; नोकरी मेळप.

placid (adj) सभावान मोवाळ; शांत; थंड; नम्र; प्रसन्नचित्त; जो तापना असो; □ ल्हारां उठनात असो; • **placidity (n)** शांत सभाव; नम्रताय; प्रसन्नताय; मनोशांती.

plagiarism (n) दुसऱ्याच्या साहित्याची चोरी; • **plagiarist (n)** साहित्यीक चोर; • **plagiarize (v)** दुसऱ्याचें साहित्य आपल्या नांवार खपोवप.

plague (n) (घो) प्लेग; अपदा; संकश्ट; अपसरण; □ महामारी; □ सतावपी व्यक्ती वा प्रसंग; बलाय; धाड; • **(v)** सतावप; नाकापुरो करप.

plain (adj) सोपो; सरळ; स्पश्ट; समजूंक कठीण न्हय असो; सामान्य; उकतो; प्रामाणिक; स्पश्टवादी; □ सजोवंक नाशिल्लो; थातो-मातो नाशिल्लो; □ मचमचीत न्हय असो; • **(n)** तळावयली जमीन; मळ; लांबचे लांब मळ कशी

जमीन; पठार; • **plain living (n)** सादें जगप; • **plain sailing (n)** अडचणीविणें काम जावप; • **plain speaking (n)** स्पश्ट, दाखयलिपय करिनासतना उलोवप.

plaint (n) तक्रार; गाराणें; दावो; कोर्टांत केल्ली फिर्याद; आरोपपत्र; • **plaintiff (n)** न्यायालयांत तक्रार करपी; वादी; फिर्यादी.

plaintive (adj) रडवो; दुखी; सुतकी कसो दिसपी; खंतेस्त.

plait (n) वीण; विणी; वेंटो; • **(v)** विणप; गुंफप; वेंटप.

plan (n) (घराचो, वास्तूचो वा एकादो बांदावळीचो) नकसो; रिस्कांनी आखिल्लें चित्र; □ पुस्तकाची मांडणी; रुपकार; □ काम करपाची माडावळ; रीत; □ योजना; तजवीज; येवजण; माडावळ; धारावणी; इरादो; • **(v)** मांडणी करप; येवजण आखप; धारावणी, तजवीज करप; □ नकसो काडप; कागदाचेर रचना दाखोवप; • **planned (adj)** आखिल्लो; माडणी, तजवीज केल्या असो (कार्यक्रम); • **planner (n)** कार्यावळ आखपी; आखणी करपी; • **planning commission (n)** योजना आखपी समिती; योजना आयोग.

plane (n) विमान; अंतराळ-यान; □ एक ऊंच वाडलो रुख; □ हारशाचें तास; □ (वृद्दीचो) दर्जो; □ लाकूड सुळसुळीत करपाची किमूळ; रांदो; □ समतळ; भूंय-सपाटी; • **(v)** लाकडाचेर वा धातूचेर रांदो मारून सुळसुळीत करप; □ विमानांतल्यान प्रवास करप.

planet (n) सूर्याभोंवतणी भोंवपी गिरो; ग्रह; • **planetarium (n)** कृत्रिम मळब, नक्षत्रां आनी गिरावळ दाखोवपी यंत्रणा; हाची इमारत; नक्षत्रशाळा.

plangent (adj) (आवाज) कळवळावपी; दुखभरीत; □ गुंजपी.

plank (n) लाकडाचें लांब फळें, तक्टो, फलक; □ कसलेय कार्यावळीचें आंग; • **(v)** बमनीर फळीं मारप, बसोवप.

plant (n) रोपो; वनस्पत; लहान झाड; □ यंत्र; यंत्रणा; □ कारखानो; • **(v)** रोपां लावप, रोवप, किल्लूंक घालप; □ दवरप; (हालना धोलना तशो) घट लावप; □ गुपीत खबरे काडूंक मनशाक एकादे सुवातेर दवरप; विचार मनांत घालप; मोख धरून धपको घालप; एकादी वस्त (बॉम्ब वी) एकादे सुवातेर लिपचोग्यां दवरप.

plantain (n) केळें; • **plantain leaf (n)** शिरती; शेनत; चौळखो; • **plantain bunch (n)** फेणो; घड; घडावलें; केळावलें; • **plantain tree (n)** केळ.

plantation (n) फळझाडांची बागायत; कुळागर; शेत; मळो; उत्पन्न दिवपी मुजरत लायिल्ली स्वावळ (रबर प्लांटेशन); • **planter (n)** धान्य, भाजीपालो रोवन काडपी शेतकामती; □ बागायत रोवपी; बागायतीचो धनी; मळ्याचो धनी.

plaque (n) नांवाची पाटी; यादस्तिकाची पाटी.

plash (n) चिखलाचें तळें; रेबकोंड; मायण; • **(v)** उदक चपचपावप; थेंबे उसळावप; □ झऱ्याचें खळखळप.

plasma (n) (घो) प्लास्मा; रक्तद्रव.

plaster (n) (घो) प्लास्टर; चुन्याचो वा शिमिटाचो वणटीर काडपाचो लेप; □ कवळ; पाप; पोटीस; • **(v)** प्लास्टर लावप; प्लास्टरांत दवरप; पाप घालप; लेप, धर काडप; • **plaster of Paris (n)** पॅरीस प्लास्टर; एक धवो पिठो (हाची आयट वा सांचो करतात; मोडिल्लें हाड जुळयले उपरांत कातीर हाचें पाप लायतात).

plastic (n) (घो) प्लास्टीक; जाय तसो आकार दिवं येता असो जिनस (चिकणमाती, मेण बी); • ताप आनी दाब दिवप घडोवंक येता असो जिनस (बेकलायट, नायलॉन बी); • **plastic arts (n)** मुर्तिकला बी; • **plastic surgery (n)** प्लास्टीक शस्त्रक्रिया (एकेकडली कात काडून दुसरेकडेन लावप).

plate (n) ताटली; थाळी; पीर; बशी; शिबें; □ पत्रो; □ नांवाची पाटी; □ पुस्तकांतलें फोटो-चित्र; • **(v)** वर्ख दिवप; गिलीट काडप; □ छापखान्यांत टायपाची प्लेट करप.

plateau (n) दोंगराचो सपाट माथो; सडो; पठार; घाटमाथो.

platform (n) (घो) प्लॅटफॉर्म; सोपो; माची; □ राजकी वा समाजीक मंच; व्यासपीठ; □ रेल्वे प्लॅटफॉर्म; फलाट.

platinum (n) (घो) प्लॅटिनम; वस्ती करपाचो एक मोलादीक धातू.

platitude (n) निरस गजाल; वाजवाजयणी खबर; □ भेळसुटें चिंतप.

Plato (n) थोर ग्रीक तत्वचिंतकाचें नांव; • **platonic (adj)** प्लॅटोच्या तत्वगिन्याना-संबंदीत; □ फकत उलोवपा पुरतो; वेव्हारांत चलना असो; □ उतरांपुरतो (मोग).

platoon (n) पलटण; शिपायांचो पंगड.

platter (n) तबक; ताट.

plaudit (n) ताळयांचो कडकड; नेटान दिल्ली शाबासकी.

plausible (adj) दिसूंक, आयकूंक बरो; पटपासारको; मानूं येत असो; घडये खरो; □ (व्यक्ती) उलोवंक गोड (पूण मनांत कपट आशिल्लो); मुद्दे बरे मांडपी.

play (n) खेळ; क्रीडा; □ मौजा; विनोद; मनोरंजन; करमणूक; □ जुगार; दाव; □ नाटक; खेळ; • **(v)** खेळप; □ जुगारांत दावार लावप; □ (वाद्य) वाजोवप; नाटकांत सवंग करप; □ वागप; • **player (n)** खेळपी; खेळगडो; □ जुगारी; □ माचयेर सवंग करपी; अभिनय कलाकार; वाद्य वाजोवपी कलाकार; • **play back (v)** (रिकॉर्ड केल्ली कॅसेट) परतून लावन आयकप; • **playback singing (n)** पार्श्वगायन; • **playboy (n)** चंगळवादी; फोल्गां मारपी पयशेकार; • **play down (v)** मोल वा म्हत्व उणें करप; • **play fair (v)** उजू चलप; नेम पाळप; प्रामाणिकपणान खेळप; • **play foul (v)** घात मारप; विस्वासघात करप; कपटान चलप; • **playful (adj)** प्रसन्न; उमेदी; फकाणेर; खेळाची आवड आशिल्लो; • **playground (n)** खेळां-मळ; खेळां-मैदान; • **playmate (n)** भुरगेपणांतलो इश्ट; बाल संवगडी; • **play safe (v)** जोखीम टाळप; • **playwright (n)** नाटककार; नाटकां बरोवपी.

plaza (n) शारांमदलें व्हडलें मैदान; चौक; □ व्यापारी संकूल.

plea (n) नीब; निमित्त; कारण; तर्क; युक्ती; □ प्रार्थना; मागणें; अर्जी.

plead (v) कोर्टांत वकिली करप; अशिलाची बाजू मांडप; • **plead guilty (v)** आपणें गुन्याव केला म्हणून मान्य करप; • **plead not guilty (v)** आपणें गुन्याव करूंक ना म्हणून सांगप; आरोप अस्वीकार करप; • **pleader (n)** (घो) प्लीडर; वकील; अधिकृत मान्यतायेन दुसऱ्याचे वतीन उलोवपी.

pleasant (adj) सुखदिणो; खोसदिणो; मनभुलयणो; आनंदाचो; गोड; • **pleasantry (n)** विनोदाची गजाल; हास्यविनोद.

please (v) प्रसन्न करप; खोशी करप;

संतुष्ट करप; रिजोवप; सुख, आनंद दिवप; बरें लागप; आवडप; पसंत जावप.

pleasure (n) खोस; प्रसन्नताय; सुख; आनंद; मौजा; समाधान; संतोस; □ खोशी; इत्सा; मर्जी; • **pleasurable** (adj) सुखदिणो; आनंद दिवपी; प्रसन्न करपी.

plebiscite (n) कसल्याय म्हत्वाच्या विशयाचेर मतदारांचें मत; जनमत; लोकमतसंग्रह; सार्वमत.

plectrum (n) तंतुवाद्यातल्यान आवाज काडचेली पाती; नाखी.

pledge (n) उतर; वचन; सोपूत; प्रतिज्ञा; □ घाणाक दवरचेली वस्त; □ पत; खूण; • (v) घाण दवरप; ताब्यांत दिवप; उतर दिवप; प्रतिज्ञा करप; सोपूत घेवप.

plenary (adj) अखिल; समग्र; सम्मतांचो; सगल्यांचो; जातूंत सगले वाघाडी वांटो घेवक शकतात अशी (सभा); पूर्ण अधिवेशन; उकतें अधिवेशन.

plenipotentiary (adj) जाका पुराय अधिकार दिल्यात असो (दूत).

plentiful (adj) खूब, भरपूर; गर्शीनी; घे म्हणून; चकचयाळ; • **plenty** (n) राम; • (adv) खूब; जायत्या प्रमाणात.

plenum (n) पूर्ण भरिल्ली विधानसभा.

plethora (n) रगतांत तांबड्या पेशींची सुमाराभायर वाड जाल्या अशी आवतिकाय; □ कित्याचीय सुमाराभायर वाड.

pleurisy (n) (घो) प्ल्युरिसी; (फोपिसाक) फुलमांवाचे भायले पिशवेक आयिल्ली सूज.

pliable, pliant (adj) वागोवंक जाता असो; बाग घेवपी; □ साणिल्लें आयकुपी; सांगणेचो; नम्र.

pliers (n) गावी; पक्कड (तार कातरपाची).

plight (n) दशा; आवतिकाय; वायट परिस्थिती; हालउपाड्रे.

plinth (n) जाचेर खांबो उबारतात ती चौकट; घरांत व्हाज, कुंडी वी दवरपाची ऊंचाट, बसका, दवरणें.

plod (v) पांय ओडून चलप; नेट करून लहवुल्हवु चलप; कश्ट करून चलप; □ गुलामाभाशेन काम करीत रावप; घाण्याच्या बैलाभाशेन कश्टप; • **plodder** (n) घाण्याचो बैल; मरमर काम करपी मनीस.

plop (n) उदकांत एकादी वस्त पडटकूच जाता तो 'बुडुक्क' आवाज; • (v) अचकीत उदकांत पडप, उडोवप; गडप जावप.

plot (n) (घो) प्लॉट; जमनीचो कुडको; (बादावळीखातीर); □ शेताची कुणगी; □ कादबरीचें वी कथानक; □ षड्यंत्र; कूट; कारस्थान; • (v) नकसो तयार करप; □ कूट रचप; कारस्थान करप; • **plotter** (n) नकसो चितारपी; □ कूट, कारस्थान रचपी.

plough (n) जोत; नांगर; □ कशिल्ली जमीन; • (v) जोत घालप; नांगरप; भूय कमप; • **the Plough** (n) सप्तर्शी.

ploy (n) वावर; कामधदो; वेवसाय; □ क्लृप्ती; हिकमत.

pluck (v) खुडप; तोडप; ओडून काडप; हुमटप; □ सोलप; सोल्ली काडप; कात सोलप; □ वाद्याची तार छेडप; □ लुटप; • (n) झटको; हिसको; □ धाडस; धिटाय; हिम्मत; कपशी; • **pluckless** (adj) भित्रुड; भिवकुरो; • **plucky** (adj) धीट; धाडशी; काळीजवंत; कपशेचो.

plug (n) (घो) प्लग; गुड्डी; गुड्डो; विजेचो प्लग; • (v) गुड्डो मारप (बंद करप); घांपप; □ प्लग लावप.

plum (n) गरोपाचें एक मांसाळ फळ; ह्या फळाचें झाड; □ मोलादीक वस्त; जाय जायशी दिसपी गजाल; राशोंतली

सगल्यांत बरी वस्त; □ मेवा; • **plumcake (n)** मेवा आशिल्लो केक (काजू, बदाम, पिस्ते बी आशिल्लो केक).

plumage (n) पिसारो.

plumb (n) (गंवड्याचो) ओळंबो (ओळंब्याचो शिश्या-गुळो); • **(v)** दर्याची खोलाय मापप; थाव घेवप; □ (उदकाचो बी) नळ लावपाचें काम करप; • **(adj)** नीट उबो; लांब; सामको; • **plumber (n)** नळ वा उदकाची टांकी बी बसोवपी; नळ-कामगार; • **plumbing (n)** नळाचें (पायपाचें) काम.

plume (n) तोपयेक, मुकुटाक बी लायतात तें पांख; पीस; • **(v)** पांखांनी नटोवप, सजोवप; □ शृंगार करप; □ किरकोळ गजाली संबंदान झेत करप; फकयो मारप.

plummet (n) ओळंब्याचो शिश्या-गुळो; गंवड्यालो ओळंबो; • **(v)** एकदम खाला पडप; देंवप (शेअरांचें मोल बी).

plump (adj) गुबगुबीत; थुलथुलीत; • **(v)** फुलोवन मोटो करप; फुलून मोटो जावप; □ अचकीत पडप; बसकण मारप; थपकल मारप; • **(n)** पडिल्ल्याचो आवाज; 'घो' आवाज.

plunder (v) (झुजांत जैत मेळ्ळे उपरांत) गांवान गांव लुटप; • **(n)** लूट; लुटीचो म्हाल; अपहरण.

plunge (v) उदकांत उडकी, बुडी मारप; बुडप; बुडोवप (काळखांत, दुख्खांत); त्रासांत घालप; संकश्टांत घालप; □ (कुडींत बी) घुसप; • **(n)** उडकी; बुडी; घट थारावणेन घाल्लें पावल; (संकश्टांत) मारिल्ली उडी; • **plunger (n)** संकश्टांत उडी मारपी; □ जुगारांत सगलें लावपी; सट्टेबाज.

plunk (v) घो करून उडोवप; मोखप; पडप; □ तंतूवाद्याचो झंकार; झण्ण् आवाज.

plural (n) (व्याकरणांत) भोववचन; अनेकवचन; • **(adj)** एकापरस अदीक; चड; भोव; जायते; अनेक.

plus (prep) अदीक; आनीक; खेरीज; • **(adj)** जमेची (बाजू); अदिकतराची; • **(n)** बेरजेचें, अदीक करपाचें चिन्न (+).

Pluto (n) (घो) प्लुटो; आयज मानतात तेप्रमाण सूर्यापासून सगल्यांत पयस आशिल्लो गिरो; □ कुबेर.

plutocracy (n) धनिकांचें; दुडवांकारांचें राज्य; धनीकशाय.

plutonium (n) (घो) प्लुटोनियम; युरेनियमापासून जावपी तत्व (जें परमाणूभट्टेंत जळव म्हणून तशेंच परमाणू बॉम करूंक उपकरता).

pluvial (adj) पावसाचो; पावसांत जावपाचो.

ply (n) थर; लेप; दोरयेचो एक धागो; • सभाव; प्रवृत्ती; • **(v)** (आवत वा उपकरण) वापरप; चलोवप; □ (व्हलो) मारप; (चरखो) चलोवप; (धंदो, वेवसाय) चलोवप; (बसीन, बोटीन) दोन सुवातांमजगतीं फेरी मारप; • **ply-wood (n)** (घो) प्लायवूड; एकार एक थर घालून केल्लें लाकूड, फळें.

pneumatic (n) वारें, फूक घाल्लो; वारें, फूक घालतकूच चलपी.

pneumonia (n) (घो) न्युमोनिया; फोपिसाक (पुलमांवाक) आयिल्ली सूज; वायदमन.

poach (v) सळसळट्या उदकांत शिजोवप; □ दुसऱ्याचे सुवातेर मान्यतायेबगर वचप; अधिकार नासतना प्रवेश करप; दुसऱ्याचे सुवातेर कासाक (शिकारेक) वचप; • **poacher (n)** मान्यतायेबगर दुसऱ्याचे सुवातेर वचपी; चोर; चोरून कास करपी.

pocket (n) पाकीट; बोल्स; पिशवी; पोती; थैली; झोळी; □ खण; • **(v)**

बोल्सांत दवरप; □ (दुसऱ्याचे पयशे बी) चोरप; खावप; हातासप; • **empty pocket (n)** जाचेकडेन पयशे नात अशी व्यक्ती; खांकनवाळ; • **pocket-book (n)** ल्हान आकाराचें पुस्तक; • **pocket--money (n)** किरकोळ खर्चाक पयशे.

pod (n) सांग (मसकाची, मटाराची बी).

podgy (adj) फोपसो; (विनोदान) गाडगुलांव; दुदीरमण.

podium (n) भाशण दितल्यापासत मंच; माची; लाब वसरो; कुडीत चारूय वणटींक तेंकोवन दवल्लेली बसका.

poem (n) कविता; गीत; पद; □ उत्कृश्ट साहित्यीक रचना; • **poet (n)** कवी; गीतकार; • **poet laureate (n)** राजकवी; राजमान्यताय फावो जाल्लो कवी; राष्ट्रकवी; • **poetics (n)** काव्यशास्त्र; • **poetry (n)** कविता; काव्य; कवित्व; पद्य.

poignant (adj) काळजात चर्र करपी; कळवळावपी; उबाबळावपी; दारूण; दुखदिणो; □ वासाक वा रुचीक मिरमिरीत; आंबट-तीख; झणझणीत, □ (उतरा) कोडु; लागपासारकीं.

point (n) बिंदु; टिंब; बारीक तिबो; □ अनुस्वार; □ दशांश चिन्न; □ जागो; थळ; सुवात; नाको; □ खीण; वेळ; वगत; □ मुद्दो; विशय; प्रस्न; प्रसग; □ म्हत्वाचो प्रस्न; चर्चेचो विशय; खाशेली गजाल; □ काणयेचो, गजालीचो अर्थ; □ फायदो; आदाव; □ कित्याचेय तोंक, धार; □ खेळातलो गुण; □ दर्जो; स्थिती; • **(v)** तोंक काडप; धार काडप; पाजप; □ परिणामकारक करप; □ (लक्षात हाडून) दिवप; (तात्पर्य) सांगप; □ इशारत करप; बोटान दाखोवप; □ (मार्ग) दाखोवप; लक्ष ओडप; संकेत करप; सुचोवप; • **point blank (n)** (फार) सामको लागींच्यान मारिल्लो; (शेरो) भीड मुरवत धरिनासतना मारिल्लो; सामको लागत असो तडक; • **point of no return (n)** जंयच्यान परतूंक मेळना अशी सुवात, परिस्थिती, मुद्दो; • **point of order (n)** बसकेचें काम नेमाप्रमाण चलना म्हणपाची चत्राय; • **point of view (n)** पळोवपाची नदर; • **pointed (adj)** तोंकाचो; तोंक आशिल्लो; चोंच कसो; लागसारको; सडेतोड; • **pointer (n)** (घडयाळीचो बी) कांटो; दिशा दाखोवपी कितेय; कितेय दाखोवपी बडी; □ खूण; खबरे-धागो; सुलूस; सुनशा; • **pointless (adj)** अर्थ, बळ नाशिल्लो; □ तोंक वा धार नाशिल्लो; मुनेल्लो.

poise (v) संतुळा, तोल राखप; □ विशिश्ट स्थितीत दवरप; (उडी मारूंक) तयार रावप; मळबांत उफेवप (पक्षाचें); • **(n)** डौल; थाट; वागपाची ऐट; आब; □ संतुळा; थिरसाण; थिराय.

poison (n) वीख; झार; □ विखार; • **(v)** वीख कालोवप, भरसप, घालप, दिवप; □ सबंद इबाडप; विखारप, • **poisonous (adj)** विखाळ; □ वायट हेतूचो.

poke (v) (हातान, बडयेन, तोंकाचे वस्तून) धोंगसप; धुकलप; सळयेन झंगळे आरतप-परतप; तोपून बुराक करप; • उचापती करप; • **poke one's nose into** दुसऱ्याच्या राटावळींनी लागनासतना लक्ष घालप; • **poke fun at** दुसऱ्याचीं फकाणां मारप.

pok(e)y (adj) (जागो) ल्हान; म्हेळो; □ (कामधंदो) किरकोळ; सामान्य.

polar (adj) ध्रुवीय; दक्षीण आनी उत्तर ध्रुवांसंबंदीत; दोन उरफाट्या दिशांक

आशिल्लो; (सभाव) विपरीत वा उरफाटो; • **polarize (v)** दोन विरोधी वर्गांनी वांटप.

pole (n) खांबो; म्हेड; खुटो; दांडो; कोंडो; □ ध्रुव (दक्षिण ध्रुव आनी उत्तर ध्रुव); मळबांतले दोन कल्पीत बिंदू (दक्षिण आनी उत्तर); • **(v)** होडें कोंड्यान ताणप; • **pole-star (n)** ध्रूव-नक्षत्र; वाट दाखोवपी उजवाड; • **Pole (n)** पोलंड देसाचो नागरीक.

polemic (adj) वाद करपी; वादी; झगडाळ; किजिली; □ वादाचो (विशय); • **(n)** चर्चा; भासाभास; □ वादांत वांटो घेवपी व्यक्ती; • **polemics (n)** (धर्मीक विशयांचेर) चर्चा; खंडण-मंडण.

police (n) (घो) पोलीस; नागरी बंदोबस्त दवरपी सरकारी नोकरवर्ग; • **policeman (n)** पोलीस; शिपाय; • **police station (n)** पोलीस थाणें.

policy (n) धोरण; नीत; कारभार; जायणी; बुदवंतकाय; • **insurance policy (n)** विम्याची पॉलिसी; • **foreign policy (n)** परराष्ट्रनीत.

polio (n) (घो) पोलियो; भुरग्यांक अपंगूळ करपी एक पिडा.

polis (n) नगरराज्य.

polish (v) चकचकीत, तिकतिकीत, गुळगुळीत करप; कळम काडप; पॉलीश काडप; □ चक्क करप; संस्कारीत करप; • **(n)** कांती; चकचकसाण; तिंवतिंवसाण; □ वस्त उजळ करपी जिनस.

politburo (n) कम्युनिस्ट पक्षाची वरिश्ठ समिती.

polite (adj) सभ्य; सुसंस्कारी; रीत-रविशेचो; शिश्ट; मर्यादशीळ.

politic (adj) (व्यक्ती) बुदवंत; समजिकायेचो; शाणो; लांब नदरेचो; □ कारस्थानी; शिटूक; चलाख; • **political (adj)** राजकी; शासनसंबंदीत; सरकारी; राजनितीक; • **political science (n)** राज्यशास्त्र; • **politician (n)** मुत्सद्दी; राजकारणी मनीस; राजकत्रां करपी; • **politics (n)** राजकारण; राज्यकारभार; राज्यशास्त्र; • **polity (n)** शासन-वेवस्था; राज्यतंत्र; □ सुसंघटीत समाज; राज्य; राष्ट्र.

poll (n) मतदान; मतमेजणी; • **(v)** मतां मेळोवप; मत दिवप, घालप; • **polling booth (n)** मतदान केंद्र.

pollute (v) दुशीत करप; म्हेळो करप; हळशिकावप; इबाडप; भश्टप; • **pollution (n)** प्रदूशण; इबाड; म्हेळसाण; □ अपवित्रिकरण.

polo (n) घोड्यार बसून हॉकीसारको खेळचेलो एक खेळ.

poly (prefix) खूब; भोव.

polyandry (n) एकापरस चड दादल्यांकडेन लग्न जावचेली चाल; बायलेन चड घोव करचेली प्रथा.

polyclinic (n) जंय वेगळ्यावेगळ्या पिडांचेर उपाय करतात अशें हॉस्पिटल; सर्वोपचार केंद्र.

polygamy (n) एकापरस चड बायलांकडेन लग्न जावचेली चाल; दादल्यान चड बायलो करचेली प्रथा; □ एकापरस चडांकडेन लग्न जावचेली प्रथा.

polyglot (adj) जायत्या भासांचो (जाणकार); भोवभाशीक (व्यक्ती); • **polyglot dictionary (n)** भोवभाशीक कोश.

polygon (n) खूब कडांची आकृताय.

polymer (n) प्लास्टीक.

polypod (adj) खूब पांय आशिल्लो (प्राणी).

polytechnic (n) तंत्रविद्यालय; धंदेशिक्षण दिवपी विद्यालय.

pomade (n) पोमाद; केंसाक लावपाचो सुवासीक लेप.

pomegranate (n) दाळीम (झाड वा फळ).

pomfret (n) एक नुस्तें; पापलेट; सरंगो.

pomiculture (n) फळां-उत्पन्न; फळांचें उत्पादन; फळबागायत.

pomp (n) थाट; दबाजो; घसघस; भपको; गाजघडघड.

pond (n) तळी; ल्हान तळें; टांक; कुंड.

pond-snake (n) दिवड.

ponder (v) चिंतन, मनन करप; ध्यान लावप, नियाळ घेवप.

ponderous (adj) जड; भारी; ◻ कठीण; पुरी करपी; बेजार करपी; कटाळवाणो; ◻ निरस; उतराच्या जवजाळांत घुसपल्लो.

pontiff (n) (कॅथलीक संप्रदायांत) पापसायब; बिशप; मुखेल पाद्री.

pontoon (n) सपाट पोंदाचें तारू; फेरीबोट; बार्ज बी.

pony (n) घोडुक; तट्टू; खेंचर.

pooh-pooh (v) किरकोळावप; किंकोत लेखप; मोल नाशिल्ले भाशेन लेखप; उणाक मानप.

pool (n) (उदकाचो) फोंड, टांक, कुंड, तळी, तळें; ◻ रास; ◻ वेवसायिकांचो संघ; वेगळ्या वेगळ्या लोकांकडल्यान दुडवांची जमा जाल्ली रास; जाका वावर करचो आसा अशांचो एकवट, ◻ वस्तूभांडार; • (v) एकठावप; वेवसायिकाचो दुडू पुंजावन एकवटीत दुडवा-कोश उबारप; वावर वा फायदो वाटप, • **pool of blood** (n) रगताचें तळें.

poor (adj) गरीब; दुबळो; कंगाल; खाकनवाळ; ◻ बाद; पांवड्यान उणाक; ◻ वशाड; ◻ थोडो; उणो; ◻ अशक्त; ◻ तुच्छ; • **the poor** (n) गरीब, दीनदुबळो लोक.

pop (v) गुड्डी काडिल्ल्याचो 'पप्प' आवाज जावप; एकदम घुसप; एकदम भायर सरप; • (adj) लोकप्रिय; • (n) फुरोटीचो आवाज; • **popcorn** (n) मक्याच्यो ल्हायो; • **pop-music** (n) लोकप्रिय संगीत; • **pop-group** (n) पॉप संगीत पंगड.

pope (n) रोमन कॅथलीक संप्रदायाचो अध्यक्ष; पोप; पापसायब; ◻ साधू; संत; महात्मा.

poplin (n) (घो) पोपलीन; एक मोव सुती लुगट.

poppy-seed (n) खसखस.

populace (n) जनता; भौस; बहुजनसमाज.

popular (adj) जनतेचो; सामान्य लोकाचो; भौशीक; सार्वजनिक; ◻ लोकप्रिय; लोकाचे आवडीचो; लोकाक जाय असो; ◻ सवाय; ◻ सोपो; सरळ; ◻ चालंत; आयज चलता ते फॅशनी प्रमाण; • **popular government** (n) लोकशासन; जनतेचें सरकार; • **popular front** (n) जनता-आघाडी; जनता-मोर्चा; • **popular movement** (n) जन-आंदोलन; • **popular taste** (n) लोकाची रूच, आवड; • **popularity** (n) लोकप्रियता; लोकाचो मोग; • **popularize** (n) लोकप्रिय करप; प्रचार करप; चालंत भाशेंत सांगप.

populate (v) वसती करप; वसती वसोवप; वसती वाडोवप; • **population** (n) एकांदर लोक; लोकसंख्या; जनता; • **populous** (adj) सुमाराभायर लोकवस्ती आशिल्लो (प्रदेश); • **populist** (adj) लोकाक खोशी करपी (कार्यावळी बी).

porcelain (n) भाजिल्ली चिनी माती; चिनी मातयेचीं आयदनां; • **(adj)** नाजूक; नकसूद.

porch (n) (घो) पोर्च; पडवी; बलकांव; फुडल्या दाराचो पाख्यां-आडोस; • **central porch (n)** वासरी.

porcupine (n) साळ (जिच्या आंगाक कांटे आसतात).

pore (n) छिद्र; ल्हान बुराक; खांच; बोंथो; चील; □ रंद्र; • **(v)** पुस्तक बी वाचपांत गुल्ल जावप; पुस्तकाचो अभ्यास करप; • **porous (adj)** चिलां पडिल्लो; छिद्रांचो; उदक, हवा बी ओडून घेवपी.

pork (n) दुकरा-मांस; • **porker (n)** मांसाखातीर पोशिल्लो दुकर; व्हडलो दुकर; • **porkling (n)** दुकरा-पील; ल्हान दुकर.

pornography (n) पोजडें साहित्य वा चित्रां; अश्लील, फाजील वर्णन.

porridge (n) सत्व; आमील; रवो.

porringer (n) वाटी; वाडगो; पीर.

port (n) बंदर; बोटींचो धको; □ बोटींत भितर सरपाचें दार; □ विमान वा बोटीची दावी वट; □ एक मद्यप्रकार; • **port town (n)** बंदर आशिल्लें शार; • **free port (n)** मेकळें बंदर; जंय आयात-निर्यात करपाच्या म्हालाचेर पटी फारीक करची पडना; • **port authority (n)** बंदर अधिकारिणी.

portable (adj) हाडूंक-व्हरूंक सोपो असो; ल्हान; हातांत धरून व्हरूं येत असो (टायपरायटर बी).

portal (n) सजयल्लें मुखेल दार; प्रवेसदार; खाशेलो दरवटो.

portent (n) शकून; फुडाराची सुलूस; □ दुश्चित्र; □ अरिश्ट; □ अजाप; नवल; विस्मीत; अद्‌भूत गजाल.

porter (n) दारावयलो मनीस; द्वारपाळ; □ रेल्वे स्टेशनांतलो हमाल; ओजेली; भाडेल; □ बाजारांतलो मानाय; □ हॉटेलांतलो कामगार; • **porterage (n)** (म्हाल हाड-व्हर करपाचें) भाडें.

portfolio (n) कागदां-पत्रां दवरपाचें पास्त, बॅग; □ मंत्रीपद; मंत्र्याचें खातें; • **minister without portfolio** खाशेलें अशें खातें नाशिल्लो मंत्री.

porthole (n) बोटीचे कडेक आसता तो उजवाडापासत, वाऱ्यापासत बुराक; जंगी; जनेल; (आदल्या काळार) भितल्ल्यान भायर फार मारूंक वणटीक दवरलेलो बोंथो.

portico (n) दारामुखावयलो माटव.

portion (n) वांटो; भाग; कुडको; अंश; □ वांट्याक आयिल्लें अदृश्ट.

portrait (n) चित्र; फोटो; रूपचित्र; प्रतिकृती; □ (मनशाचें वा थळाचें) वर्णन; • **portray (v)** चित्र काडप; वर्णन करप; □ सवंग करप; माचयेर काम करप.

pose (n) कुडीची (देहाची) ठेवण; धाटणी; मुद्रा; • **(v)** चित्र वा फोटो काडपाखातीर उबो रावप वा बसप; □ (फटोवपाखातीर) आव हाडप; देखावो करप; • (प्रस्न) उबो करप; सादर करप; प्रस्न विचारून सतावप; भेश्टावप; • **poser (n)** प्रस्न विचारपी; □ समस्या; कठीण प्रस्न.

posh (adj) टक्क; चक्क; □ उंची; चकचकीत-झगझगीत (हॉटेल).

position (n) उबो रावपाची वा बसपाची धाटणी; मोड; तरा; □ योग्यताय; अधिकार; पदवी; स्थिती; प्रतिश्ठा; • **(v)** एके सुवातेर बसोवप, दवरप, मांडप; थाणें थारावप.

positive (adj) दुबावाविरयतचो; नक्की; स्पश्ट; खात्रीचो; विधायक; हयकारी; जाची खात्री जाल्या असो; □ शुन्यापरस अदीक;

□ (बिजली) पोझिटीव; (फोटो) पोझिटीव; □ सामान्य (विशेषण).

posse (n) पोलीस पंगड.

possess (v) (वस्तू, भाट-बैंस आदींचो) धनी आसप; कितें पूण मालकचें आपल्या ताब्यात आसप; आंगांत गूण वी आसप; • (भुताची बी) बादा जावप; □ तकलेंत एकूच घेवन बसप; • **possession (n)** अधिकार; धनीपण; ताबो; • **possessions (n)** संपनी; इस्टेट; आस्पत; भाट-बैंस; □ वसणुको; • **possessor (n)** धनी; मालक; जाच्या हातात वा ताब्यात वस्त वा कितेय आमा तो.

possible (adj) घडू येत असो; करूं येत असो; साध्य; शक्य; जो कामा येत असो; • **(n)** शक्य जाता तें काम; • **possibility (n)** शक्यताय; संभव; आस्त.

post (n) खाबो; स्तंभ; खूंटो; □ (घो) पोस्ट; टपाल; पत्रां; □ (घो) पोस्ट ऑफीस; □ पद; नोकरी; □ जय गावन लागशुकेक पाळी दिवक जाय ती सुवात; □ चौकी; मेट; □ कार्यभार; वावर; • **(v)** पत्रका, जायगती वणटीर बी मारप; □ जायगात दिवप; □ पत्रा पोस्टांत घालप; पोस्टातल्यान धाडप; □ खातेवहींत नोंद करप; □ शिपाय, पोलीस जाग्यार दवरप; • **postage (n)** टपाल खर्च; • **postage stamp (n)** टपाल तिकट; • **postman (n)** (घो) पोस्टमन; टपाल वाटपी; • **post mark (n)** टपाल शिक्को; • **(n)** पोस्ट ऑफीस; टपाल कचेरी; • **post paid (adj)** जाचो टपाल खर्च पयलीच फारीक केला असो; • **(prefix)** उपरांत, पश्चात.

postdate (v) उपरातची तारीख घालप; • **post dated cheque (n)** उपरांतची, मुखावयली तारीख घाल्लो चेक.

poster (n) (घो) पोस्टर; वणटी-पत्रक; वणटीक लावचेली व्हड जायरात.

posterior (adj) उपरांतचो; फाटलो; • **(n)** फाटली वट.

posterity (n) मुखावयन्यो पिळग्यो; संतत; वंशज; □ उपरांत येवपी लोक.

postern (n) किल्ल्याचें, कोटाचें फाटलें दार; भुंयारी वाट.

postgraduate (adj) पदवे उपरांतचो; पदव्युत्तर; • **(n)** (घो) पोस्ट ग्रॅज्युएट.

posthumous (adj) मरणोंनर; मेल्ले उपरांत दिल्लो (पुरस्कार); □ बापायच्या मरणा उपरांत जल्मल्लें (बाळक); □ लेखकाच्या मरणा उपरांत उजवाड्ड आयिल्लें (पुस्तक).

posting (n) नियुक्ती; • **posting order (n)** नियुक्ती आदेश.

post-meridian (adj) (संक्षेप : p.m.) दनपाराउपरांतचो.

post-mortem (adj) मरणाउपरांतचो; • **(n)** शवपरिक्षा; मेल्ले कुडीची तपासणी; □ घडणुके उपरांत केल्ली चर्चा.

post-natal (adj) बाळंत जालेउपरांतच्या काळासंबंदीत; जल्माउपरांतचो.

postpone (v) (कार्यक्रम) स्थगीत करून फुडें दवरप; धारयल्ली तारीख रद्द करून फुडे दवरप; • **postponement (n)** विलंबन.

postscript (n) (संक्षेप : p.s.) पत्राचेर निशाणी मारून जालेउपरांत बरयल्लो अदिकतराचो मजकूर; वरकड मजकूर.

postulate (v) गृहीत धरप; दावो करप.

posture (n) उबो रावपाची वा बसपाची थाटणी; धारणा; आव.

post-war (adj) झुजाउपरांतचो.

pot (n) आयदन (तपलें, मडकें, कुळणें बी); कसलेंय आयदन; • **(v)** दोणांत घालप; □ (रोपो) व्हाजांत रोवप; • **flower-pot (n)** (घो) व्हाज; कुंडी; • **pot-belly (n)** धोन; • **pot-bellied (adj)** धोनयो; पोट सुटिल्लो; (विनोदान) दुदीरमण.

potable (adj) पियेवचेलें (उदक बी); पियेवंक योग्य; • **potables (n)** पियेवचेलीं; पेयां; पिवनां.

potato (n) बटाट; • **sweet potato (n)** कणंग; • **potato yam (n)** कारांदो.

potent (adj) प्रतापी; जबरदस्त; शक्तवंत; □ फळादीक; गुणाक पडुये असो; आंगांत तांक आशिल्लो; • **potency (n)** शक्त; बळ; नेट; कुवत; □ वखदी गूण; • **potential (adj)** जाच्यांत तांक आसा असो.

pot-hole (n) खड्डो; फोंड; फोंडकूल; होंडो.

potion (n) पोसांव; वैजान फर्मायल्लें पातळ मिश्रण; □ विखाचो घोंट.

potter (n) कुमार; मातयेचीं आयदनां, वस्तू करपी कारागीर; • **(v)** नसत्या कामांत वेळ वगडावप; हेडून दीस सारप; वाळेस कसो भोंवप; • **potter's clay (n)** कुमाराची माती; • **potter's wheel (n)** कुमाराचें चक्र; • **pottery (n)** कुमारकाम; कुमारकामाची साळ; मातयेचीं आयदनां करपाची कला; मातयेचीं आयदनां आनी हेर वस्तू.

potty (adj) किरकोळ; नगण्य; मोल नाशिल्लो; □ कोल्ली; पिसो.

pouch (n) ल्हान पोती; पोती; बोटवो; चंची; बोल्सांत दवरपाचें पाकीट; □ कांय प्राण्यांचे सकनळयेंतली पोती; □ कांगारू आपल्या पिलाक सांबाळटा तो पोटखण.

poultry (n) (घो) पोल्ट्री; पोशिल्ल्यो कोंबयो, बदकां बी; • **poultry farm (n)** कोंबयो पोसपाचें केंद्र.

pounce (v) धरपाखातीर वा फापसून उडोवंक आंगार उडी मारप; तुटून पडप; झोपय मारप; झडप घालप; • **(n)** अचकीत घाल्ली उडी; झडप; झोपय; □ आदल्या काळार वापरताले तो तींत वाळगवपाचो पिठो; कोळशाचो पिठो (पोंदा चित्र येवचें म्हणून बारीक बारीक बुराक आशिल्ल्या कागदार बी घालपाचो).

pound (n) (संक्षेप : lb); अर्द किलापरस मातशें उणें माप; रात; □ (घो) पाऊंड; (चिन्न : £); ब्रिटीश चलन; □ रस्ताद गोरवांक बांदून दवरपाची सुवात; • **(v)** रस्ताद गोरवां धरून बंदिस्त दवरप; रस्त्याक आडखळ करपी गाडयो बंदिस्त दवरप; □ मुसळान कुटप; कांडप; चेंचप; पूड करप; धाडावप; □ लुसकान करप; □ दार नेटान धाडावप; घबघब करून धांवप.

pour (v) धारेन ओतप; व्हांवोवप; व्हारोवप; □ हरंधारांनी पावस पडप; □ शिवरप; □ व्हांवप; □ घोग्यांनी येवप; धार लागप; □ मनांतलो ओग घालप; • **(n)** उटंगांराचो पावस.

pourboire (n) चिरिमिरी (च्या खातीर).

pout (n) नुस्त्याची एक जात; □ **(v)** (ओंठ) लांबप; □ तोंड फुलोवप; रागार-फुगार जावप.

poverty (n) गरिबी; दळडीर; □ उणाव; □ नास्त.

powder (n) चूर्ण, चुरो; बुको; पिठो; पूड; □ (आर्माची) दारू; • **(v)** (तोंडाक बी) पो मारप; □ पिठो करप; पूड करप.

power (n) कुडीची शक्त; बळ; तांक; नेट; त्राण; □ बुद्दीचें बळ; कळाशी; □ वावर करपाची तांक; योग्यताय; □

अधिकार; अधिकार-क्षेत्र; □ सत्ता; शासन; □ बळिश्ट; वजन आशिल्ली व्यक्ती; □ संयमारीक सत्ता; संयमारातलें बळिश्ट राश्ट्र; □ यंत्र-शक्त; विद्युत-शक्त; • (v) गाडी, बोट हाका विजेची पुरवण करप; शक्तीची पुरवण करप; • **powerful (adj)** बळिश्ट; शक्तवंत; जबरदस्त सत्ता आशिल्ली; शेक चलोवपी; वजनादीक; • **powerless (adj)** बळ नाशिल्लो; अबळो; दुबळो; प्राण नाशिल्लो; लाचार; दुर्बळ.

practicable (adj) उपकरावपासारको; वेंकारात हाडपासारको; वेंकारीक; शक्य असो; □ (मार्ग) जाचेर येतादारी करू येता असो.

practical (adj) वेंकारात हाडू येता असो; वेंकारीक; करून दाखोवपाचो; प्रयोग करपासारको; वेंकारकुशळ; • (n) परिक्षा (प्रयोग करून दाखोवपाची).

practice (n) सदची सवय; अभ्यास; रिवाज, दस्तूर; चाल; रीत; प्रथा; अणभव; येमाय, तालीम; उजळणी, • **practise (v)** वेंकाय घालोवप; अभ्यास करप; येमाय मारप; आचरण करप; आचरात हाडप.

practitioner (n) (चिकित्सादेसबद्दीत) डॉक्टर, वैद्य, हकीम वी.

pragmatic (adj) वेंकारीक नदरेन प्रस्न हाताळपी.

praise (v) तोखोवप; तुस्त करप; वखाणीक गावप, गुण वर्णप; मान्यताय आनी आदर प्रगटावप; • (n) तुस्ती; तोखवणी; तोखणाय.

pram (n) बाबागाडी; भुरग्याक वसोवन धुकलपाची गाडी.

prank (n) मस्करी; भगल; फकाण; □ फकाणानी कोलावप; तिडावप; भगलो मारप; • **prankster (n)** फकाणेर; खेतबागडी करपी.

prate (v) बडबडप; पचकें उलोवप; वाचाविदळपण करप.

prattle (v) भुरग्याभाशेन बडबडप; • (n) भुरग्याची बडबड; किटकीट; नसतो बोवाळ.

prawn (n) सुंगट, वागी बी.

pray (v) प्रार्थना करप; गाऱ्हाणें घालप; मागणें करप; बेसांव मागप; रोजार करप; □ याचना करप; मागप; गळवज्ञा येवप; • **prayer (n)** प्रार्थना; उपासना; नमाज; □ याचना; मागणें; विनंती; □ वानसा; इत्मा

preach (v) प्रवचन दिवप; उपदेश करप; शिकवण दिवप; धर्मप्रचार करप; □ बरो मार्ग दाखोवप; • **preacher (n)** प्रवचन दिवपी; धर्मप्रचारक.

preamble (n) (एकादल्या ग्रंथाची, कायद्याची) प्रस्ताचना; उपोद्घात; सुर्वेची दोन उतरां.

pre-arrange (v) आदीं पयलीं माडणी करप; पयलींच वेवस्था करून दवरप; पयलींच घारावप.

precarious (adj) खात्री दिवं नज असो; नशिबाचेर आधारिल्लो; संकश्टांत आशिल्लो; (रिडेस्तांची वलायकी) सुरू ना अशी; गंभीर; नशिबाचेर सोडपाची.

precast (adj) जाग्यार घट बसोवचे आदीं-पयलींच तयार केल्ले (कॉंक्रीट ब्लॉक).

precaution (n) पयलींच घेतिल्लो उपाय; चत्राय; शिटूकसाण; (वायट घडचे न्हय म्हणून) आदीच केल्लो वंदोबस्त; पूर्वजतनाय.

precede (v) (वेळ आनी सुवातेर) दुसऱ्याआदीं येवप वा वचप; मुखार-मुखार चलप; पदवेन व्हडलो आसप; अपेक्षेपरस मोलादीक आसप; • **precedence (n)** हेरांपरस पयलीं येवपा-वचपाचो अधिकार;

अग्रक्रम; व्हडपण; भोवमान; • **precedent (n)** आदलो दाखलो; फाटली देख; आदीं घडिल्ली गजाल; पूर्वदृश्टांत; पूर्वनिर्णय.

precept (n) देवाची आज्ञा; चलपाचो नेम; □ विधी; कायदो.

precinct (n) प्राकार; सराद; वास्तूभोंवतणच्या दुरगाभितल्लो वाटार; • **the precincts (n)** भोंवतणचो प्रदेश; शेजार; सराद; शीम.

precious (adj) मोलादीक; अमोलीक; अपरूप; • **precious metals (n)** भांगर, रुपें वी; • **precious stones (n)** हिरे, माणकां, पाचू वी.

precipice (n) कडो; कडसो; देगाण; घळ; पाताळ.

precipitate (v) धुकलप; अचकीत उडोवप (देशाक झुजांत उडोवप); शेवटप; (घडणूक) वेळ जावचे आदीं घडोवन हाडप; उतउतेपण करून संकश्ट आपोवन घेवप; धेंब जावन पडप; • **(adj)** गडबडीन, धांवीधांवी केल्लो; फाटींफुडें चिंतिनासतना केल्लो; □ उतउतो; अविचारी; अंदाधुंद.

precis (n) सार; सारांश; अर्क; संक्षेप.

precise (adj) जथापथ; जिस्ताजिस्त; जशातसो; सारको; नीट; एकसुती; □ ऐन (वेळ); चड बारिकसाणेचो; जिस्त; • **precision (n)** अचूकपण; सारकाय; निटाय; बारकाय.

preclude (v) आडावप; मना करप; जावचेंना अशें करप; आडवारावप; कडसरावप; भायर दवरप; आसपाव करिनासतना दवरप.

precocious (adj) बेगीन पिकिल्लो; वेगीं जून जाल्लो.

preconceive (v) आदीं-पयलीं थारावप; पयलींच मनांत धरप; पयलींच येवजिल्ली (कल्पना); पूर्वधारणा; • **preconception (n)** पूर्वग्रह; पूर्वतर्क; पयलींच मनांत घट भरप.

precondition (n) पूर्वअट; आदींच मान्य करपाची अट.

precursor (n) पयलीं येवपी; मुखार चलपी; फुडाराची इशारत दिवपी; पूर्वसुची दिवपी; फेस्ताची फाम घालपी.

predate (v) कागदपत्राचेर फाटली तारीख घालप; म्हत्वाचे घटनेपयलीं घडप.

predatory (adj) लुटीर पोट भरपी; वाटमारी करपी; लुटीपासत घरां फोडपी (जमात); खावडीपासत दुसऱ्या प्राण्याक मारपी; परभक्षी (जनावर).

predecessor (n) पूर्वज; (आज आसा ताचे) आदीं अधिकारार आशिल्ली व्यक्ती; माजी अधिकारी; □ आदली वस्तू वा वास्तू.

predestinate (v) भाग्यांत बरयल्लें; • **(v)** भाग्यांत बरोवप; पयलींच बरयल्लें वा थारायिल्लें आसप (अदृश्ट); • **predestination (n)** प्रारब्ध; निर्मण; अदृश्ट; नियत.

predetermine (v) आदींपयलीं थारावप; निश्चीत करप; भाग्यांत बरोवप; • **predetermination (n)** पूर्वसंकल्प; पयलींच घेतिल्ली थारावणी.

predial (adj) शेताभाटांसंबंदीत; घरभाटांसंबंदीत; □ गांवाचो; गांवगारो; • **(n)** प्रेदियाल.

predicament (n) कठीण परिस्थिती; अरिश्ट; इपत्त; वायट आवतिकाय; दुर्दशा; त्रांगडें; कुचमण.

predicate (n) गूण; लक्षण; □ (व्याकरणांत) विधेय; • **(v)** कोणाय विशीं निश्चयान सांगप; निवेदन करप; विधान करप.

predicatory (adj) प्रचाराचो; धर्मप्रचारासबंदीत; उपदेशाची (मागणी).

predict (v) पयलींच (फुडलें) सांगप; फुडार वर्तप; भविश्य सांगप; • **predictor (n)** फुडार-सांगती; □ विमानाची ऊंचाय, गती, दिशा बी दाखोवपी यंत्र.

predilection (n) आवड; ओड; मोग; रूच.

predominate (v) (दुसऱ्याचेर) वर्चस्व गाजोवप; (दुसऱ्याक) ताब्यांत दवरप; दुसऱ्यापरस वरतां जावप; संख्येन सगळ्यापरस चड जावप.

pre-eminent (adj) सर्वश्रेष्ठ; सर्वोत्तम; सगल्यांपरस व्हडलो.

pre-empt (v) विकतो घेवपाचो हक सगल्यांत पयलीं वापरून विकतो घेवप; □ दुसऱ्याक मद फावो जावचे पयलींच हातासप.

preen (v) (शेवण्यान) चोचीन पांखटे ठाकठीक करप; □ (मनशान) निर्मळ वस्त्र नेसप; ठाकठीक जावप.

pre-established (adj) पूर्वमाणीत; पूर्वसिद्ध.

pre-exist (v) आदीं सावन आसप.

prefabricate (v) घर वा इमारतीचे कांय भाग मुटे दुसरकडेन घडोवप; घराचे कांय भाग स्वतंत्र रितीन तयार करप.

preface (n) प्रस्ताव; प्रस्तावना; (पुस्तकात) सुरवेचीं उतरां; उपोद्घात.

prefect (n) हेरांचेर नदर दवरपी मनीस (इस्कोलांत बी).

prefer (v) बडटी दिवप; बरकत दिवप; □ तक्रार करप; □ चड वस्तूतल्यान पसंत करप; वेंचप; पत्करप; • **preference (n)** पसत केल्ली, वेंचून काडिल्ली वस्त, व्यक्ती; पसती; निवड; • **preferential (adj)** खाशेलो; वरतो; पसतीचो; फावोराचो.

prefix (n) उपसर्ग; पूर्वप्रत्यय; • **(v)** उपसर्ग लावप; आदीं जोडप.

pregnancy (n) गुरवचार; गर्भोत्पत्ती; □ गाबणेपण; • **pregnant (adj)** गुरवार; गर्भोत्पत्त; जड; □ (गोरू) गाबणें; □ अर्थान, विचारान भरिल्लो; फळादीक.

prehistoric (adj) इतिहासाआदलो; बरोवप सुरू जालां ताचे आदलो.

prejudge (v) आगोपीक पयलींच गुन्यावगार धारावप; चवकशीविणें नीत करप.

prejudice (n) तर्कट; पूर्वग्रह; पूर्वधारणा; कुडडो भावार्थ; पक्षपात; • **(v)** दुसऱ्याचे कान फुकप; दुसऱ्याक एकादऱ्याविशीं बायट मागून ताच्या मनांत पूर्वग्रह निर्माण करप; दुसऱ्याचे मन खट्टळ करप; लुमकान करप.

prelate (n) बिशप, आर्चबिशप बी.

preliminary (adj) सुरवातीचो; सुर्वेचो; मुळाचो; पूर्वतयारीचो; प्रस्तावनेचो; • **preliminaries (n)** तयारी; (कार्यावळीचे) पयलीं करपाचें काम.

prelude (n) (कार्यावळीचो) नांदी; पूर्वरंग; मंगलाचरण; प्रस्ताव; पूर्वसुची; □ सुरू जावचे पयलींचें संगीत.

premature (adj) अवेळार येवपी, जावपी; अवेळावयलो; □ उळउळो; उतउतो; • **premature baby (n)** धारिल्ल्या वेळापरस कांय सप्तकां पयलीं जल्माक आयिल्लें बाळक.

premeditate (v) आदीं-पयलीं येवजप वा धारावप; • **premeditated (adj)** पयलीं धारावन, आखणी करून केल्लो (खून बी).

premier (adj) म्हत्व, क्रम आनी वेळासंदर्भात पयलो वा वरतो; • **(n)** प्रधानमंत्री.

premiere (n) नाटक सिनेमाचो पयलो

खेळ; पयलें प्रदर्शन.

premises (n) घर आनी ताचे मुखावयलो जागो; व्यापारधंद्याची सुवात; भवन; वाटार; (कायद्याच्या लिखितांत) बरयलां तें घरदार बी; □ अनुमान काडचेपयलींचो मुद्दो; • **premiss (n)** मूळ मुद्दो; आधारवाक्य.

premium (n) विम्याचो हप्तो; □ तसरीप; पुरस्कार; इनाम; □ कळंतर वा पगाराचेर अदीकतराची जमा; बोनस; लाभांश; फायदो.

premolar (n) दाडयेआदलो दांत; उपदाड.

premonition (n) आभास; शकून; सुलूस; पूर्वसुची; शिटकावणी; इशारत.

preoccupy (v) हेरांआदीं आडावप, भरप; मनांत भरप.

prepare (v) तयार रावप; तयार करप; तयारी करप; • **preparation (n)** तयारी; मांडावळ; अभ्यास; □ खाणाचें आयतेमन; तयार जिनस.

prepay (v) (भाडें, मोल बी) पयलींच फारीक करप.

preponderant (adj) वजन वा संख्येन अदीक; वजनादीक; मोलादीक; चड म्हत्वाचो; मुखेल.

preposition (n) उपसर्ग; शब्दयोगी अव्यय; संबंदसूचक अव्यय.

preposterous (adj) विपरीत; हांसपासारको; उरफाटो.

prerequisite (n) कितेंय करचेआदीं जिची गरज आसता अशी गजाल वा वस्तू; पूर्वगरज.

prerogative (n) खाशेलो अधिकार; हुद्याक लागून प्राप्त जाल्लो अधिकार.

prescribe (v) नेम घालून दिवप; लागू करप; वैजान वखद फर्मावप; पाठ्यपुस्तक लावप; • **prescription (n)** नेम; वैजान फर्मायल्लें वखद; वैजाचें रसेत.

presence (n) हाजिरी; उपस्थिती; सांगात; □ परिणामकारक अस्तित्व; • **presence of mind (n)** प्रसंगावधान; प्रसंगा वेळार दाखोवचेली धिटाय; • **present (adj)** हजर; उपस्थित; • आतांचो; वर्तमानकाळाचो; • **(n)** वर्तमानकाळ; हो वेळ; □ भेटवस्त; सागवाद; • **(v)** (नाटक बी) सादर करप; वळख दिवप; मांडप; • **presentable (adj)** दर्शनसंतोशी; प्रसन्नवदन; (वस्तू) भेट दिवपाक योग्य; (कपडे) वापरपासारके; • **presentation (n)** भेटवस्त अर्पण करप; प्रदान; समर्पण; □ (विशय) मांडप; मांडणी; □ अभिनय प्रदर्शन; सादरीकरण; प्रस्तुतीकरण.

preserve (v) सांबाळप; राखण दिवप; तगोवन दवरप; जतनाय घेवप; वाटावप; • **(n)** लोणचें, हालवो, मुरांबो बी; □ चरवाची मड्डी; □ राखून दवरलेली सुवात; • **preservative (n)** तगोवन दवरपी रसायणीक पदार्थ; □ मीठ, साखर बी.

preside (v) बसकेचो, सभेचो अध्यक्ष जावप; अध्यक्ष जावन बसका, सभा चलोवप; • **president (n)** (संस्थेचो, सभेचो बी) अध्यक्ष; □ राष्ट्राध्यक्ष; (भारताचे) राष्ट्रपती.

press (v) चेपप; दामप; चिड्डप; चिरंगुटप; घाण्यांत घालप; □ कपड्यांचेर फेर्र मारप; □ ताकतीक लावप; फाटीक लागप; आग्रो धरप; • **(n)** पत्रकार; पत्रवेवसाय; □ छापखानो; □ फेर्र; दाब; • **press cutting (n)** वर्तमानपत्राचें कातरण; • **press conference (n)** पत्रकार परिशद.

pressure (n) दाब; भार; वजन; वजें; ताण; □ दग्द; कश्ट; अडचण; ताकतीक; गरज; • **pressurize (v)** ताण घालप; भार घालप; दाब चडोवप; हवेचो दाब जिस्ताजिस्त करप; • **pressure cooker**

(n) प्रॅशर कूकर.

prestige (n) इज्जत; नामना; नांव; पत; प्रतिष्ठा; मान; भोवमान; वडवीक; • **prestigious** (adj) नांवाजतो; पतीचो; प्रतिष्ठेचो; भोवमान्य; लोकिकाचो.

presume (v) (आधार नासतना) मानप, दिसप, धरप; • (खात्री नासतना) धाडस करप; • **presumption** (n) मानिल्ली, धरिल्ली गजाल; अदमास; अनुमान; □ धाडस; धिटाय; खरमस्ती.

presuppose (v) आदी-पयलींच मानप; धरप; (अमके जातलें म्हणून) धरून वचप; • **presupposition** (n) पूर्वधारणा; पूर्वकल्पना.

pretence (n) देखावो; आव; प्रदर्शन; फोज; बतावणी; नीब; • **pretend** (v) देखावो करप; सजगा, फोज्रा करप; बतावणी करप; (नकळ आसतना) जाणा म्हण मागप; • **pretension** (n) आव; दावो; हक; अधिकार; देखावो

pretext (n) (अडचे) नीब; खरें लिपोवक केल्लें तडडक.

pretty (adj) (भुरगें) गोमटें; सुकुमार; नाजूक; (बायल) सुदर; □ मनभुलवणी; ओडनायणी; • (adv) बरोच; खूब; जायतो.

prevail (v) जय जावप; येस जोडप; ताबो मेळावप; □ (दुसऱ्याक) तयार करप; (मागणें) चलप; पटोवप; □ चालत आसप; चालू आसप; एकादें मत (दुसऱ्या मतापरस) बरें धारप; • **prevalent** (adj) सद्या चालत आशिल्लो; व्यापक; (पिडा) चालू आशिल्ली.

prevent (v) आडावप; आडवारप; आडावण घालप; खोडो घालप; (घडटा तें) मना करप; (अपघात) घडतापासून आडावप; • **prevention** (n) आडावण; घडचे पयली घडचें नये म्हणून घेतिल्लो उपाय; • **preventive** (adj) निवारक; घडचें नये म्हणून घेतिल्लो (उपाय); • (n) निवारक उपाय; निवारण.

preview (n) (फिल्म, नाटक आदींचें) पूर्वप्रदर्शन; लोकाक दाखोवचे पयलीं पत्रकारांमुखार बी दाखोवण.

previous (adj) (क्रमान, काळान) आदलो; पयलींचो; गेल्लो; फाटलो; □ ताकतीक करपी; • (adv) आदीं; पयलीं.

pre-war (adj) झुजापयलींचो; युद्धपूर्व.

prey (n) खावपाखातीर जांचो शिकार करतात अशे प्राणी; □ शिकार; काम; पारध; • (v) शिकार, काम करप; □ लुटप; □ पिडा-रोगाची शिकार जावप; भकीक पडप.

price (n) मोल; दर; किंमत; • (v) मोल, दर थारावप; मोलावप; मोलाची चीट वस्तूचेर लावप वा मोल वगेरे; मोल थारावप; • **price control** (n) दर नियंत्रण; • **priced** (adj) जाचें मोल आमा वा घडवन्तां असो; • **high priced** (adj) म्हाग; मोलाक चड असो; • **low priced** (adj) सवाय; मोलान उणो; • **priceless** (adj) अमोलीक; मोलादीक; चड मोलाचो; जो दुडवांनी बी मोलावं नज असो; • **price-list** (n) दर-पत्रक; • **price-tag** (n) (घो) दराचे लेबल; दराची चीट (वस्तूक लायिल्ली).

prick (v) तोपप; रोमप; विंधप; □ (मनात) खावप; कुचकुचप; □ सतावप; □ चुरचुरप; □ बोंचप; • (n) कितेय पूण तोपता तसलें; तोंक; कांटो; □ तोपून केल्लो बुरुक; छिद्र.

pricket (n) मेणबात लावपाची कांडी.

prickle (n) आंगावयलो कांटो; फळाचेर

येवपी कांटो; कूस; तोंक; • (v) चुरचुरप; • prickly (adj) बोंचावपी; चुरचुरावपी; • prickly heat (n) घामोळें; पुळेर.

pride (n) अभिमान; स्वाभिमान; गर्व; अहंकार; घमेंड; हांवपण; हंतम; दों; • pride of place (n) ऊंचली सुवात; भोवमानाचें स्थान; प्रतिश्ठेचें पद.

priest (n) पुजारी; पुरयत; □ पाद्री; • priestly class (n) पुरयत वर्ग; पुजारी वर्ग.

prig (n) अतिशिश्टाचारी; □ चड धर्मिश्ट कसो दाखोवपी; दंभी; • priggish (adj) ढोंगी; चड हांवपण आशिल्लो.

prim (adj) (व्यक्ती, रीत-रवीस) शालीन; नम्र; गंभीर; भिडेस्त; □ रीत-रविसो पाळपी; उपचारीकपणाचेर भर दिवपी; वायट गजाली नापसंत करपी; □ (बायलमनीस) मयदिची; शालीन; लजेस्त.

prima (adj) पयलो; मुखेल; • prima ballerina (n) पंगडांतली मुखेल अभिनेत्री वा नर्तकी; • prima donna (n) पंगडांतली मुखेल गायिका; • prima facie (adj) दोळ्यांत भरपी; लक्षांत येवपी; • प्रथमदर्शनी (गवाय); • (adv) पयले नदरेंत पळोवंक गेल्यार.

primacy (n) श्रेश्ठता; मुखेल सुवात; □ आर्चबिशपाचो हुद्दो.

primary (adj) आदलो; आदिम; □ बुनयादी; मुळावो; प्राथमिक; □ मुखेल; सगल्यांत म्हत्वाचो.

prime (adj) पयलो; मुखेल; सुर्वेचो; प्रधान; □ बेस बरो; जाका त्याच आंकड्यान भागूंक जाता वा दुसऱ्या खंयच्याच आंकड्यान भागूंक जायना असो अविभाज्य आंकडो.

prime minister (n) प्रधानमंत्री; पंतप्रधान.

primer (n) (घो) प्रायमर; मुळावें पुस्तक; □ वणटीक बी काडपाचो मुळावो रंग.

primitive (adj) आद्य; आदिम; आदल्या काळांतलो; प्राचीन; सुर्वेचो; मुळावो; पूर्वपुरातन; □ रानवट; मागाशिल्लो; असंस्कृत.

primordial (adj) आदल्या काळार सावन आशिल्लो; पयलो.

primrose (n) हळडुवीं फुलां दिवपी फुलझाड; □ हळडुवसार रंग.

primus (adj) पयलो; प्रथम; □ केरोसिनाचेर चलपी एक स्टोव (प्रायमस).

prince (n) राजकुंवर; राजकुमार; (कांयकडेन) राजा; • prince consort (n) राणयेचो घोव; • princess (n) राजकुंवरी; राजकुंवराची बायल; • princely (adj) राजाचो; राजकुमाराचो; राजाक फावोसो; □ मोलादीक; चड सोबीत.

principal (adj) मुखेल; प्रधान; • (n) (घो) प्रिन्सिपल; प्राचार्य; मुख्याध्यापक; □ व्यापारी कंपनीचो अध्यक्ष; □ मूळपुरुस; □ धनी; मालक; □ मुदल; मूळ रक्कम.

principle (n) मूळ; तत्व; सिद्धांत; □ उजू चलपाचो कायदो; नेम; □ सत्यनिश्ठा; उजू चलणूक.

print (n) छाप; ठसो; कुरू; निशाणी; • मुद्रण; छपाई; छापणावळ; □ छापी अक्षर, अक्षरां; □ फोट्याची प्रत; छापिल्ली प्रत; • (v) निशाण, चिन्न, छाप, म्होर लावप वा मारप; मनार छाप उदेत अशें करप; पुस्तक बी छापप; कपड्याचेर नक्षी छापप; • fingerprint (n) हाताच्या बोटांचो छाप; • footprint (n) पांयांचो छाप; • in print छापखान्यांत; छापिल्ल्या रुपांत; • out of print विकतें मेळना अशें पुस्तक; ज्या पुस्तकाची आवृत्ती खपल्या अशें पुस्तक; • printer (n) मुद्रक; छापखान्याचो धनी; □ छापचेलें काम करपी मनीस; • printing

press (n) छापखानो; मुद्रणालय; □ छापचेलें यंत्र.

prior (adj) आदींचो; पयलींचो; □ (क्रिस्तांव) मठाचो महंत; • **priority (n)** अग्रक्रम; पयलो मान; सगल्यांपरस वरतो मान; प्राथमिकता; हेरांपरस पयलीं करपाचें काम.

prism (n) (घो) प्रिझम; त्रिकोनी आकृतायेचें भींग.

prison (n) बंदखण; कादय; जेल; • **prisoner (n)** बंदी; कैदी; बंदखण भोगपी.

pristine (adj) आदल्या काळचो; पुरातन; प्राचीन.

privacy (n) एकांत; एकमुरी सुवात; एकांतवास; • **private (adj)** गुपीत; गुमानीत; □ अ-सरकारी; □ खासगी; गैर-सरकारी; □ निज; व्यक्तीगत; □ आडगत.

privation (n) अभाव; उणाव; □ गरजेच्या वस्तूंची तूट; दळडोर; खाकनवाळ अवस्था; वस्तू मेळपाची मागमारी; □ (गरिबीक लागून सोंसचे पडटात ते) कश्ट; दगदग.

privilege (n) खाशेलो हक; खेरीज अधिकार; आदाब; • **privileged class (n)** सगले सायमगीत मेळटा असो वर्ग; खाशेले अधिकार प्राप्त जाल्यात असो वैंचीक वर्ग.

privy (adj) गुपीत; गुमानीत; खासगत; • **(n)** शौचालय; □ सांगाती; वांगडी; • **privy purse (n)** आदल्या संस्थानिकाक सरकारकडल्यान नेमान मेळपी प्राप्ती.

prize (n) पुरस्कार; तसरीप; इनाम; □ प्रयत्न करून मेळोवचेली वस्तू; □ झुजांतली तूट; दर्यातली तूट; • **(v)** मोलादीक लेखप; म्हत्व दिवप.

probable (adj) शक्यतायेंतलो; शक्यताय आशिल्लो; घडुये वा खरो जावंय असो; पळोवंक सारको दिसता असो; • **probably (adv)** दिसता ते प्रमाण.

probation (n) नोकरेक दवरचे पयलींचो परिक्षाकाळ; उमेदवारी; □ बरे वागणुकेक लागून कैद्याक मवलत दिवपाची तजवीज.

probe (n) वैजाचें धाय तपासपाचें शस्त्र; □ तपासणी; चवकशी; □ म्हायती पुंजावपाचें मनशास्त्रियतचें अंतगाळयान; • **(v)** (वैजान) धाय तपासप; चवकशी करप; □ खोलाय मेजप; वाग्किसाण काडप; म्हायती पुंजावप.

probity (n) उजू चलणूक; सत्यनिश्ठा; खरेपण; प्रामाणिकपण.

problem (n) प्रस्न; गणीत; घोळ; कठीण प्रसंग; उमार्णे; कुवाडें.

procedure (n) कार्यपद्दत; कामाचो रीत.

proceed (v) फुडें सरप; नीट वचप; □ खटलो घालप; चलोवप; • **proceeds (n)** उपज; उत्पन्न; येणावळ.

proceedings (n) कायदेशीर कारवाय; □ उजवाडा आयिल्लो वाको; कोर्टांचे, विधानसभेचे, संसदेचे बसकेचो नियाळ.

process (n) घडिचार; प्रक्रिया; गती; चाल; क्रम; उदगत; □ फिर्याद; खटलो.

procession (n) मिरवणूक, जथो, दिंडी; पार; भोंवडावणी; पुरसांव.

proclaim (v) जाहीर करप; घोशणा करप; • **proclamation (n)** जाहीर कळोवणी; पगटावणी; घोशणा; फर्मान.

proclivity (n) ओढ; बाग; कल.

procrastinate (v) काम करूंक कळाव करप; वेळ लावप; फुडाराक दवरप; दिर्गा लावप; मेतरावप; • **procrastination (n)** कळाव; दिर्गा; लांबणी.

procreate (v) (संतत) जल्माक घालप; उत्पन्न करप; □ फळोवप; • **procreation**

(n) प्रजनन; □ फळणी.

procure (v) (प्रयत्ना उपरांत) प्राप्त करप; सांपडावप; मेळोवप; संपादप; सोदून फैदा करप; □ (शिंदळकी करपी बायलेखातीर) दलाली करप.

prod (v) तोपणान कोंचप; (बोटान, बडयेन) तोपून धुकलप; जनावराक अंकूश लावप; □ कोमार काडप; तिडावप; • (n) तोपण; पराणी; सूळ; □ कोंचणी; □ फाटबळ.

prodigal (adj) फोल्गी; पयशे कशायकशे मोडपी; चंगळवादी; खर्चीक; नश्टखर्च करपी; □ काळजान उदार; हातान सदळ.

prodigy (n) चमत्कार; अद्भूत गजाल; अजापाची वा अपरूप वस्त; अजापाचें घटीत; □ अजापाचें प्रतिभासंपन्न बाळक वा व्यक्ती.

prodrome (n) (एकादऱ्या ग्रंथाचो विशय समजावपी) पुस्तिका; □ प्रस्तावना.

produce (v) (व्यक्ती; वस्तू) मुखार हाडप; सादर करप; दाखोवप; □ (खेळ) माचयेर सादर करप; छापून बी उजवाडा हाडप; □ म्हाल तयार करप; उत्पादन करप; □ फैदा करप; □ जल्म दिवप; • (n) उत्पन्न; पीक; पिकावळ; कारखान्यांतलें उत्पादन; □ फळ; परिणाम; • **producer** (n) (म्हालाचें) उत्पादन करपी; □ नाटक वा फिल्म तयार करपी, सादर करपी.

product (n) परिणाम; फळ; पीक; उत्पादन; □ गुणाकार (फळ); • **production** (n) उत्पादन; निर्माण; निर्मिती; उपज; पीक; पिकावळ; साहित्यीक रचना; कृती; कलाकृती; नाटक, फिल्म बी; • **productivity** (n) उत्पादनक्षमता.

profess (v) उकतेपणान सांगप; मान्य करप; □ आव हाडप; □ (विशिश्ट) वेवसाय करप; □ शिकोवप; □ भावार्थ बाळगप; आस्त बाळगप; □ (धर्म) मानप; (धर्माचो) अनुयायी जावप; • **profession** (n) कामधंदो; वेवसाय; (वकीलकी, वैजकी बी); • **professional** (adj) वेवसायाकडेन संबंदीत; वेवसाय कसो.

professor (n) (घो) प्रोफेसर; प्राध्यापक; आचार्य; गुरु; शणै; शिक्षक.

proficient (adj) फिशाल; निपुण; प्रवीण; तज्ञ; तरबेज.

profile (n) (मनशाचें) एके कडेंतल्यान दिसपी रूप; □ रुपकार; □ बरयल्लें संक्षिप्त चरित्र; थोड्या ओळींनी चरित्र वर्णन.

profit (n) व्यापार-धंद्यांतलो फायदो; जोड; लाव; आदाव; येणावळ; □ हीत; कल्याण; बरेपण; • (v) बऱ्याक पडप; फायदो जोडप; • **profitable** (adj) फायद्याचो; लावाचो; हिताचो; जोड दिवपी; • **profiteer** (n) फावता ताचेपरस चड फायदो काडपी; म्हालाची तूट आसतना वस्तू म्हारग विकून फायदो जोडपी.

profligate (adj) चरित्रहीन; व्यभिचारी; दुर्वतनी; □ फोल्गी.

proforma (n) (घो) प्रोफोर्मा; नमुनो; पत; • **proforma invoice** (n) बिलाची नमुनो प्रत.

profound (adj) खोल; अगड; गंभीर; गाड; □ मनापासूनचो; अंतस्करर्णाचो; • **profound scholar** (n) प्रकांड पंडित; • **profound statesman** (n) दूरदर्शी राजनितिज्ञ.

profuse (adj) उदार; मेकळो; उपाट; चकचयाळ; चिकार; □ सदळ; • **profuse bleeding** (n) भळभळीत रगत व्हांवप.

progeny (n) संतान; संतती; भुरगीं-बाळां; वंश; □ तांतीं-पिलो; पिती.

prognosis (n) (पिडेची) पूर्वतपासणी; पूर्वसुची; अंदाज.

programme (n) (घो) प्रोग्राम; कार्यक्रम; कार्यावळ; आक्त; □ सुचीपत्र; कार्यक्रमाची वळेरी.

progress (n) तरतर; प्रगती; उदरगत; विकास; □ वाढ; सुधारणा; □ (v) प्रगती करप; फुडें सरप; उदरगत जावप; सादप; • **progressive** (adj) तरतरत वचपी; उदरगतीच्या मार्गार चलपी; □ नव्या विचारांचो; सुधारणावादी; पुरोगामी.

prohibit (v) मना करप; आडावप; • **prohibition** (n) बंदी; मनाय; □ दारुबंदी; नशाबंदी.

project (n) प्रकल्प; येवजण; मांडणी; थारावणी; □ अभ्यास; संशोधन; • (v) (दिसता तसो) वयर सरप; भायर, वयर, मुखार सोडप; येवजण आखप; मांडणी करप.

proletariat (n) सगल्यात गरीब, कश्ट करपी समाज.

proliferate (v) चड प्रमाणात उत्पन्न जावप, करप, वाढ जायत रावप.

prolific (adj) विकार; फळादीक; पिकाळ; □ खूप (बरोवपी).

prologue (n) प्रस्ताव; प्रस्तावना; नांदी; पूर्वरंग.

prolong (v) वाडोवप; लांबोवप; मुखार करप; कळाव करप.

promenade (n) भोंवडो; भोंवडेचो मार्ग; दयदिगेवयलो रस्तो.

prominence (n) नदरेत भरसारकी गुणात; ऊंचलें आसन; □ खाशेलकाय; खेरीतपण; व्हडवीक; महत्व; • **prominent** (adj) सुरोल; नदरेत भरपी; खाशेलो; नावाजलो; मुखार येवपी.

promiscuous (adj) क्रम नाशिल्लो; भरस कसो; खिचडी कसो; उजवो दावो लक्षांत घेनासतना केल्लो; □ अनाचारांचो, धरबंद नाशिल्लो; चवचाल; व्यभिचारी; शिंदळकेचो.

promise (n) उतर; वचन; भास; प्रतिज्ञा; प्रमाण; सोपूत; □ बरकत; □ भरवंसो; आस्त; • (v) उतर, वचन दिवप; प्रतिज्ञा करप; भरवंसो दिवप; भास दिवप; • **promising** (adj) उदेतो; बरकतीचो; बरो फुडार आसा असो; फुडें येवपी; • **promissory note** (n) वचन-पत्र; पयशे फारींक करपासंबंदान बरोवन दिल्लें उतर-पत्र; लेख; • **breach of promise** (n) उतरघात.

promontory (n) दर्यांत शिरिल्लो डोंगुल्लो; मुळो.

promote (v) कर्तेपण वडटी दिवप; आदलेपरस ऊंचलें पद दिवप; वयर काडप; फाटबळ दिवप; □ (संस्था वी) स्थापूंक वाचप; □ (वस्तू खपची म्हणून) जायगत करप; मांडणी करप; हातभार लावप; • **promotion** (n) वडटी; □ फाटबळ; हातभार; □ उदरगत; बरकत.

prompt (adj) तत्पर; वेळच्या वेळार काम करपी; कळाव लायना असो; • (v) फाटबळ दिवप; (बरी बायट करपी करूंक) कोमार काडप; उचांबळावप; (मनांत) विचार जागोवप; □ माचयेर काम करतल्याक उलयतना भितल्यान भाशण सांगप; • **prompter** (n) (घो) प्रॉम्प्टर; माचयेर काम करतल्याक भितल्यान भाशण सुचोवपी; अनुबोधक; □ करणी करूंक फाटबळ दिवपी; • **promptly** (adv) रोखड्यारोखडें; तेन्नाचे तेन्ना; तत्काळ; तत्परतायेन; कळाव करिनासतना.

promulgate (v) (कसलोय कायदो)

जारी करप; लागू करप; □ पसवप; प्रचार करप; परगटावप; घोशणा करप; • **promulgation (n)** प्रचार; प्रसार; लागू करप (कृती).

prone (adj) (हात) उमथो; उमथो न्हिदिल्लो; • **proneness (n)** प्रवृत्ती; कल; ओड; बाग.

prong (n) दांतरें आशिल्लें खणपाचें आवत; कांट्यांच्या कुलेराचो (फॉर्काचो) एक कांटो; • **two-pronged attack** दोन वटांनी घाल्ली घुरी.

pronoun (n) सर्वनाम; नामाबदला वापरपाचें उतर.

pronounce (v) उच्चारप; सांगप; निकाल दिवप; निवाडो जाहीर करप; मत परगटावप; • **pronouncement (n)** जाहीर कळोवणी; घोशणा; • **pronunciation (n)** उच्चारण; उच्चार.

proof (n) प्रमाण; गवाय; रुजवात; आधार; दाखलो; पुरावो; पत; □ परिक्षा; परिक्षण; तपासणी; □ छापखान्यांतलो तपासपाचो मजकूर (प्रूफ) • **(adj)** कसलोच परिणाम जायना वा भितर कितेंय रिगना अशी (वस्त); • **proof-reader (n)** छापणावळींतल्यो चुको सुधारपी मनीस; (घो) प्रूफ-रिडर; • **bullet-proof (adj)** फाराची गुळी रिगना अशी (गाडी); • **sound-proof (adj)** आवाज आयकूंक येना अशी (मांडणी); • **waterproof (adj)** उदक रिगना अशी (घडयाळ).

prop (n) धिगी; म्हेड; खांबो; आधार, आलाशिरो; • **(v)** वणखप; आधार; आलाशिरो दिवप.

propaganda (n) प्रचार; धर्मप्रचार; मतप्रचार; जायरात.

propagate (v) प्रचार करप; पसवप; प्रसार करप; □ वंश वाडोवप.

propel (v) यंत्रान फुडें व्हरप; गती दिवप.

proper (adj) योग्य; फावोसो; सारको; खरो; तोच; खाशेलो.

property (n) आस्पत; संपत्ती; भाटां-बेसां; म्हालवज; □ सभावगूण; लक्षण.

prophecy (n) भविश्यवाणी; फुडार-पारखणी; • **prophesy (v)** फुडार पारखप; भविश्य वर्तप; □ उपदेश करप; सल्लो दिवप; • **prophet (n)** फुडार सांगपी; भविश्य वर्तुपी; □ देवाचो संदेश पातळावपी; पैगंबर; • **the Prophet (n)** महम्मद पैगंबर.

propitious (adj) हिताचो; बऱ्याचो; शुभ; मंगल; धार्जण्याचो; पवित्र; सुगुर्व्याचो.

proponent (n) प्रस्ताव मांडपी; सभेमुखार प्रस्ताव दवरपी; मताचो पुरस्कार करपी; समर्थक.

proportion (n) वांटो; भाग; अंश; □ एके वस्तुचें दुसरे वस्तू बाबतींतलें प्रमाण; □ अंदाज; हिशोब; अदमास; • **proportionate (adj)** समतोल; जुळपी; फावो त्या प्रमाणांत आसा असो.

proposal (n) प्रस्ताव; मागणें; सुचोवणी; □ विवाह-प्रस्ताव; लग्नाचें मागणें; • **propose (v)** प्रस्ताव मांडप; मुखार दवरप; सुचोवप; सादर करप; □ लग्नाचो प्रस्ताव मांडप; लग्नाचें उलोवणें मागणें करप; • **proposition (n)** प्रस्ताव; निवेदन; हाताळपासारकी गजाल; लक्षांत घेवपासारकी खबर.

propound (v) विचार करपाखातीर मांडप.

proprietor (n) मालक; धनी; • **proprietress (n)** मालकीण; धनीण.

propriety (n) चलणुकेंतलें उजूपण; मर्यादा; सभ्यताय.

prorogue (v) सत्रावसान करप; अधिवेशन, बसका सत्रापुरती बंद करप.

prosaic (adj) काव्य नाशिल्लो; गद्य; रुक्ष; ओलसाण ना असो.

prose (n) गद्य; जें काव्य न्हय अशें बरप; □ सुकें वेव्हारीपण; □ सामान्य चालंत भास; □ उबगण हाडपी गजाल, चर्चा.

prosecute (v) (कसलेंय काम) करप; करीत रावप; चालू दवरप; □ कायद्याचे उपाय घेवप; खटलो घालप, चलोवप; • **prosecution** (n) चलोवप; चालू दवरप; □ खटलो चलोवप; खटलो चलोवपी लोक; फिर्यादी पक्ष; • **prosecutor** (n) वादी; फिर्यादी; • **public prosecutor** (n) सरकारी वकील.

prospect (n) व्हड निसर्गदृश्य; □ ध्यान; लक्ष; नदर; आस्त; उमेद; • **prospects** (n) फुडार; फुडाराविशींच्यो घडण्यो; शक्यतायो; जाका संद मेळुये अशी व्यक्ती; जाचे (तिकेट मेळटली म्हणून, पुरस्कार मेळटलो म्हणून) नाव घेतात असो मनीस; • **prospective** (adj) शक्य असो वा गृहीत धरिल्लो (फुडार, न्हवरो बी).

prospectus (n) वावराची, सस्थेची बी म्हायती दिवपी पुस्तिका.

prosper (v) फुलप; फळप; तरतरप; उदरगत जावप, करप; यश जोडप; वसप; वाडोवप; • **prosperity** (n) यश; जैत; तरतर; उदरगत; बरकत; भाग्य; गिरेस्तकाय; • **prosperous** (adj) बरकतीक पाविल्लो; तरतराचेर आशिल्लो; फुलता, फळटा असो; □ शुभ; मंगल.

prostitute (n) वेसवा; नायकीण; शिंदळ; • **prostitution** (n) वेश्यावेवसाय; शिंदळकी; कुडीचो धंदो; इज्जत विकप.

prostrate (v) साश्टांग नमस्कार घालप; न्हिदून पांयां पडप; □ हारोवप; थार उडोवप; नाका-पुरो करप; खरस हाडप; • (adj) साश्टांग नमस्कार घाला असो; जमनीर पडून नाक घांसता असो; हारिल्लो; जाचे कुडीक वळ उरूंक ना असो.

protagonist (n) कथेंतलें, नाटकांतलें मुखेल पात्र; चरित्र-नायक; □ फुडारी; कित्यांतूय वांटो घेवंक फुडें आसपी; □ (कार्यांचो, ध्येयाचो) मुखेल समर्थक; पाठलावदार.

protect (v) वाटावप; वांचोवप; राखण करप; सुगूर दवरप; सांबाळप; आलाशिरो दिवप; • **protection** (n) राखण; सांबाळ; आलाशिरो; संरक्षण; • **protector** (n) रक्षक; राखणदार; आलाशिरो दिवपी; □ आवरण; धांकणें; नाका ताचेपासून संरक्षण दिवपी वस्त.

protectorate (n) बळिश्ट देसाचे राखणेखाला आशिल्लो देस.

protégé (n) आश्रित; पाळवो; जाका आलाशिरो दिला असो.

protein (n) (घो) प्रोटीन; प्रथीन; दूद, तांतीं, मास हांतलें पुश्टीक तत्व.

protem (adj) तत्पुरतो; ह्या वेळापुरतो; **pro tempore** चो संक्षेप.

protest (v) निशेध मारप, परगटावप; विरोध दाखोवप; स्पश्ट आनी खर उतरांनी सांगप; • (n) निशेध; विरोध; □ असंमती.

Protestant (n) (घो) प्रोटेस्टंट; क्रिस्तांव धर्मातलो एक फांटो (रोमन कॅथलीक पंथांतल्यान फुटून भायर सरिल्लो).

protocol (n) सरकारी शिश्टाचार; □ कबलातेचो मसुदो.

protoplasm (n) जीवद्रव्य; वनस्पती आनी प्राण्यांचो जीवन-रस.

prototype (n) मूळ प्रत (जे प्रतीपासून नव्यो प्रती तयार करतात); आद्यरूप; खंयचीय

वस्त तयार करपेचयलीं घडयतात तो तिचो नमुनो; नमुनो-प्रत.

protract (v) वेळ वाडोवप; लांबोवप; □ हात-पांय पातळावप; □ विस्तारावप; • **protracted (adj)** लांब; जायतो काळ चलत आशिल्लीं (उलोवणीं); लांबिल्ली (पिडा बी).

protractor (n) कोन मेजपाचें वा चितारपाचें साधन.

protrude (v) (दांत बी) भायर सरिल्लो आसप; (बुराकांतल्यान बी) भायर सरप; फुडें येवप.

proud (adj) अहंकारी; बडवचाराचो; आपूण आपणाक व्हड समजुपी; उर्मट; घमेंडी; गर्विश्ट; कोरेसांवांचो; □ व्हडविकेचो; आपणाक धन्य मानपी; अभिमान बाळगुपी; • **proudly (adv)** अभिमानान; गर्वान; खोशयेन; व्हडपणान.

prove (v) पुरावो; गवाय दिवन सिद्ध करप; खरें, बरोबर म्हणून दाखल करप; रुजवात करप; प्रमाणीत करप; खरें थारप; शाबीत करप; शाबीत जावप; सिद्ध जावप; □ थारप.

proverb (n) म्हण; म्हणणी; सांगणी; ओपार; □ सगळे जाणात अशी खबर; • **proverbial (adj)** लोकप्रसिद्ध.

provide (v) वेवस्था करप; तयारी करप; गरज भागोवप; पुरवण करप; तजवीज करप; मांडणी करप (जेवणा खाणाची, रावपाची बी); • **provided (adj)** जाची सगले तेरेची तजवीज सारकी बरी जाल्या अशी (व्यक्ती); • **(conj)** जाल्यारूच; तरूच.

providence (n) सावचीतपण; शिटूकसाण; चत्राय; बुदद; मुखावयलें पळोवपाची नदर; काटकसर; • **Providence (n)** ईश्वर; देव; देवाची कृपा; सासाय; • **provident (adj)** मुखावयलें येवजुपी; दूरदर्शी; दिश्टाव्याचो; □ काटकसरी; • **provident fund (n)** भविश्य निर्वाह निधी; फुडाराचो सुगुर्वो; • **providential (adj)** देवाचे कृपेक पात्र जाल्लो; भाग्याचो; दैवाचो; • **providential escape (n)** सुदैवान जाल्ली सुटका (अपघातांतल्यान बी).

province (n) प्रदेश; प्रांत; □ वावराचो वाटार; • **provincial (adj)** प्रदेशीक (वेंचणुको बी); □ गांवगारो; □ संकुचीत; प्रदेशापुरतो (विचार).

provision (n) तजवीज; मांडणी; वेवस्था; तयारी; • **provisions (n)** खावपा-जेवपाचें, संवसाराचें सायित्य; • **provision stores (n)** संवसाराक लागतल्या चालंत जिनसाचें दुकान; भुसारी म्हालाचें दुकान; पसरो; मांड.

proviso (n) (कबलातींतलें) अटीचें कलम; अट.

provocation (n) तीड; खुबळावणी; कोलावणी; उचांबळाय; चाळोवणी; • **provocative (adj)** खुबळावपी; उचांबळावपी; तिडावपी; कोलावपी; • **provoke (v)** खुबळावप; उचांबळावप; चिथावप; तिडावप.

prow (n) तारवाचो तोंक आशिल्लो फुडो; अणी; तारवा-मूख; विमानाचें नाक.

prowess (n) झुजांतलो पराक्रम; शूरताय; वीरताय; कपशी; व्हड कर्तूब; □ कळाशी.

prowl (v) कासाक, शिकारेक वचप; सावदाची शिकार करूंक वचप; सोदीत भोंवप; खांची कोनशांनी भोंवप.

proximate (adj) लागीं आशिल्लो; म्हऱ्यांतलो; बगलेचो; शेजारचो; • **proximity (n)** लागसारपण; शेजार; संबंद; • **proximo (adj)** फुडल्या म्हयन्याचो; येत्या म्हयन्याचो; फाल्यांचो.

proxy (n) प्रतिनिधी; प्रतीव्यक्ती; मुखत्यार; ◻ एकादऱ्यान दुसऱ्याक दिल्लो आपल्या नांवान उपस्थित रावपाचो, मत घालपाचो अधिकार; • **proxy war** (n) आतंकवाद्यांवरवी बी दुसऱ्या देशाआड चलयल्लें झूज.

prudence (n) समजिकाय; बुद्द; शाणपण; वेव्हारीकपण; • **prudent** (adj) शाणो; बुदवंत; समजिकायेचो.

prune (v) (रूख) वडसप; भेडसप; बेणावप; बोडकावप; (पुस्तकातलो) नाका तो भाग काडून उडावप, कातरप; • (n) सुकें प्लम फळ; मनुका.

pry (v) (खबर काडूक) नदर वा लक्ष घालप; तकली मुखार घालून पळोवप; भिकारभासो करप; उचापती करप; (दार बी) वाराव घालून उकतें करप; नेट लावन फोडून उकतें करप.

psalm (n) भजन, स्तोत्र; धर्मगीत; स्तवन; • **psalmist** (n) गीतकार, अभंग, भजना, स्तोत्रा बरोवपी; • **psalmody** (n) भजनांचो, अभंगांचो संग्रह.

psaltery (n) एक सारंगी सारकें वाद्य.

psephology (n) वैचणूक वा मतदानाची विसकावणी, विवरण.

pseudo (prefix) नकली; अडेचो; आभासी; फटीचो; बनावटी; तथाकथीत; • (adj) देखावो करपी; फोन्न करपी; ◻ नावाचो; नावापुरतो; • **pseudonym** (n) लटकें नांव; अडेनांव.

psyche (n) आत्मो; ◻ चित्त; मानस; मन; • **psychic** (adj) मनासबदान; मानसीक; आत्मिक.

psychiatrist (n) मनोरोगतज्ञ; मनोरोगविज्ञानी; मानसोपचार करपी वैज; • **psychiatry** (n) मनोरोगविज्ञान.

psychoanalysis (n) मनोविश्लेशण; मनाचो अभ्यास करपाचें आनी अंतर्मनाच्या गांठी उस्तून मानसीक पिडेचेर उपचार करपाचें शास्त्र.

psychology (n) मानसशास्त्र; मनीस आनी हेर प्राणी हांच्या सभावगुणांचो अभ्यास; ◻ मनोवृत्ती; • **psychotherapy** (n) मानसीक रोगाचेर उपाय.

pub (n) (घो) पब; बार; तावेर्न; गादी.

puberty (n) जुवानपण; यौवन; लग्नाची पिराय; (चलयेक) न्हाण.

public (n) लोक; जनता; भौस; ◻ (adj) भौशीक; सार्वजनिक; जाहीर; ◻ सरकारी; अधिकृत; ◻ मुखावयलो; उकतो; • **publicly** (adv) चारचौगामुखार; रायरस्ती; • **public carrier** (n) भाड्याची पिकप वा ट्रक; • **public demand** (n) लोकाचें मागणें; • **public health** (n) लोकाची भलायकी; सार्वजनिक आरोग्य; • **public holiday** (n) सार्वजनीक रजा; भौशीक सुटी; • **public library** (n) सार्वजनीक वाचनालय; • **public nuisance** (n) भौशीक सुवातेर लोकांक उपद्रव; • **public opinion** (n) जनमत; लोकमत; • **public relations** (n) जनसंपर्क; लोकसंपर्क; • **public road** (n) सरकारी मालकेचो, भौशीक रस्तो; • **public protest** (n) जाहीर निशेध; • **public servant** (n) सरकारी नोकर, सेवक; • **Public Works Department** (n) लोकनिर्माण विभाग; भौशीक बांदकाम खातें.

publication (n) (पुस्तकाचें बी) प्रकाशन; (उजवाडा आयिल्लो) ग्रंथ, पुस्तक, पत्रिका बी; ◻ उजवाडा येवप; लोकामुखार दवरप.

publicity (n) प्रचार; प्रसिद्धी; ◻ जायरात (वेवसाय); • **publicize** (v) लोकामुखार

दवरप; जायरात करप; परगटावप.

publish (v) उजवाडा हाडप; जाहीर करप; □ पुस्तक छापून विकपाखातीर उजवाडा हाडप; पुस्तकाचें प्रकाशन करप; □ परगटावप; • **publisher (n)** प्रकाशक (पुस्तकांचो).

pudding (n) (घो) पुडींग.

puddle (n) (पावसाच्या उदकाचें) कोंड; फोंड; फोंडकूल; • **(v)** रेब्यांत लोळप; खातोणांत पडप; खदूळ उदकांत हातपांय मारप; • काम इबाडप; वाट लावप; खदूळ करप.

pudgy (adj) फोपसो; (विनोदान) गाडगुलांव; दुदीरमण.

puerile (adj) पोरांट्यांचो; पोरखेळसो; नेणट्यांचो; भुरगेपणांचोसो; □ तुच्छ.

puff (n) वाऱ्याचें ल्हानशें ल्हार; झोत; फूक; तोंडांतल्यान सोडिल्लो धुंवराचो भपकारो; इंजिनान सोडिल्लो धुंवराचो लोट; □ लुगटाचो बी ल्हानसो गोंडो; पो मारपाचें फूल; □ पेपरांत पुस्तकाची, लेखाची अती तोखणाय; □ म्हालाची अतितायेन भरिल्ली जायरात; • **(v)** फूक मारप; फुंकप; □ इंजिनान भक् भक् करून धुंवर भायर सोडप; तोंडांतल्यान सिगरेटीचो धुंवर सोडप; □ पो मारपाच्या फुलान पो मारप; • **puffed (adj)** फुलिल्लो; • **puffed paddy (n)** ल्हायो; • **puffed rice (n)** चिरमुल्यो; • **puffy (adj)** रोखडोच खरसुपी; देहान फोपसो.

pugnacious (adj) झगडाळ; किजिलां मारामारी करूंक फुरफुरपी; □झुजाची आवड आशिल्लो.

puke (v) ओंकप; ओंकूंक लावप.

pull (v) ओडप; ओडून भायर काडप; खुडप; तोडप; ताणून धरप; फुडें सरप; वचप; • **(n)** हिसडो; ओडप (कृती); □ ओड; आकर्शण; प्रभाव; □ (सोऱ्याचो) मोटो घोंट.

pullet (n) निकतीच तांतयां घालूंक लागिल्ली कोंबी.

pulley (n) (घो) पुली; □ बांयची बी गाडी; गडगडो.

pulmonary (adj) फोपिसांसंबंदीत; पुलमांवांसंबंदीत.

pulp (n) फळाचो गरोप; कागदाचो लादो; रांदो; • **pulpous (adj)** चड गरोप आशिल्लो; मांसाळ.

pulpit (n) मंच; माची; वेदी; □ इगर्जेंत पाद्री जंय उबो रावन प्रवचन दिता ती सुवात.

pulsate (v) धडधडप; खपखपप; कलकलप; (काळीज) उडप; आंग कांपप; थरथरप; कडकडप; □ रसरसप.

pulse (n) नाडी; नाडयेचो ठेको; नाडयेचें स्पंदन; गती; • **(v)** (नाडी) उडप; • **pulses (n)** कड्डणां; दाळी.

pulverize (v) दळप; पीठ, पूड, बुको करप; चूर्ण करप.

puma (n) दक्षीण अमेरिकेंतलें वागाच्या वर्गणांतलें सावद.

pummel (v) परपरत धुमकावप; मुठींनी मारप.

pump (n) (घो) पंप; पिचकारी; टायराक वारें घालपाचो पंप; पेट्रोल पंप; बांयंतल्यान उदक ओडपाचो पंप; • **(v)** पंप चलोवप; □ काळजाक रगताची पुरवण जावप; □ टायरांत फूक भरप; □ चवकशी करून भितल्ली खबर काडप; गोम उकती करप.

pumpkin (n) दुदी; कुंवाळो.

pun (v) (विनोद करूंक) उतराचो दोट्टी वापर करप; • **(n)** दोट्टी अर्थाचें उतर; कोटी; उतराचो खेळ.

punch (n) (घो) पंच; कागदाक,

चामड्याक बी बुराक करपाचें उपकरण; साधन; □ धपको; घुमको; □ तांक; बळ; रग; • (v) पश्याचेर, कागदाक, चामड्याक बी बुराक करप; खिळो मारून बुराक करप; कोंचप.

punctual (adj) वेळेचें भान राखपी; वगतार येवपी; जो कळाव लायना असो.

punctuate (v) (वगात) विरामचिन्नां घालप; □ आडकथा मागून भाशण फुलोवप; भाशणाक हालचालींनी रंग भरप; • **punctuation** (n) विरामचिन्न बरोवप; विरामचिन्न.

puncture (n) (गो) पंक्चर; टायराक पडिल्ली बोथो, चील; • (v) बोथो; चील करप वा पडप.

pungency (n) (वास, रूच) तिखमाण; मिरमिरसाण; झणझण; मचमच; • (दुख) सामकी चड; • **pungent** (adj) तीख; मिरमिरीत; झणझणीत; आबट-तीख; □ भणभणीत.

punish (v) क्यास्त लावप, दिवप; शिक्षा करप; □ मारप; पेटप; बडोवप; दंड घालप; • **punishable** (adj) क्यास्त लावक फावता असो (गुन्हाय); • **punishment** (n) दंड; सजा; क्यास्त; मुल्त; पानचळ; • **capital punishment** (n) मृत्यूदंड; मरणाची क्यास्त; • **punitive** (adj) क्यास्त म्हणून लागू केल्ली; शिक्षा म्हण फर्मायल्लें (काम).

punk (n) मातशें कुशिल्लें लाकूड; □ उपकरना तमनी, भायर मारपाची वस्त; □ नालायक, कित्याक उपकरना असो मनीस.

puny (adj) लहान; दुबळो; □ तुच्छ; किरकोळ; बाबत.

pup (n) सुण्या-पेटो; पील; • (v) वियेवप; • **puppy** (n) सुण्या-पेटो.

pupa (n) कोशांतलो किडो.

pupil (n) शिश्य; विद्यार्थी; छात्र; शिकपी; □ दोळ्यांतली मंडोळी, बावली.

puppet (n) खाममुत्री बावलें; कोणेय नाचोवची अशी व्यक्ती.

purchase (v) विकतो घेवप; • (n) खोरदी; विकती घेतिल्लो वस्त; • **purchasable** (adj) विकतो घेवं येता असो.

pure (adj) निवळ; निर्मळ; शुद्ध; पवित्र.

purgative (n) भायगी; • **purge** (v) नाका तें काडून उडोवप; निवळ करप; □ भायगी घेवन कोठो साफ करप; □ आपल्या राजकी पक्षांत जे नाकात तांकां धांवडावप.

purification (n) निवळावणी; शुद्धिकरण; नेगवणी; • **purifier** (n) निवळ, शुद्ध करपी; • **purify** (v) निवळ करप; शुद्ध करप; नेगावप; □ पातकांतल्यान मुक्त करप.

puritan (adj) धर्म वा नितीनेमांचे बाबतींत कर्मठ.

purity (n) पवित्रताय; शुद्धताय; स्वच्छताय; निवळसाण.

purl (n) (विणपाचो) परतो टांको; रेंद; जर; □ व्हावत्या उदकाचो मंजूळ आवाज; उदकाचे झुळझुळ व्हावप; • (v) परत्या टाक्यान विणप; गोट लावप; उदकाचें मंजूळ आवाजांत व्हांवप.

purple (adj) जांबळो; वांयग्या-रंगाचो.

purport (n) तात्पर्य; सार; अर्थ; आशय; • (v) अर्थ अमकांच आसा अशें दिसप.

purpose (n) उद्दिश्ट; हेतू; इरादो; कार्य प्रयोजन; • (v) हेतू आसप; • **purposefully** (adv) मुजरत; अदूण.

purr (n) घुरंघुर आवाज; माजराचें सुखान घुरघुरप.

purse (n) (गो) पर्स; पयशांचें पाकीट; बोटवो; मोगाची भेट वा पुरस्कार म्हणून

दिल्ली रक्कम.

pursue (v) फाट धरप; फाटीक लागप; सतावप; सोदप; सोदीत भोंवप; काम करीत रावप; फुडें व्हरप; मुखार सरप; • **pursuit (n)** अभ्यास; प्रयत्न; सोद.

purview (n) वावराचो आटाप; □ आवाठ.

pus (n) मातेर; पूं.

push (v) धुकलप; दामप; घुसडप; फुडें व्हरप; फाटबळ दिवप; उमेद दिवप; फुडें वचप; तकालस घेवप; धक्को दिवप; • **(n)** दाब; धक्को; फाटबळ; प्रयत्न.

put (v) घालप; दवरप; सांगप; मांडप.

putrefy (v) इबाडप; पुलेवप; कुसप; • **putrid (adj)** इबाडिल्लो; कुशिल्लो.

putt (v) पेल्ल बडयेच्या तोंकान धुकलप (बिलियर्ड खेळांत बी).

putty (n) जनेलाक हारशे लावपाची चिकटी; बेतूम; लांबी; □ लुकण; □ हारसो चकचकावपाची पूड.

puzzle (n) कुवाडें; उमाणें; प्रस्न; समस्या; □ गोंदळ; दुबाव; तंद्रे; • **(v)** कुवाड्यांत पडप; गोंदळप.

pyjamas (n) पायजमो; पिजाम.

pylon (n) तोरण; मिनार; मनोरो; ऊंच खांबो; □ विमान चलयतल्यांक वाट दाखोवपी खांबो.

pyorrhoea (n) दांतांची पिडा; दांतांतल्यान रगत, पूं बी व्हांवप.

pyramid (n) (घो) पिरामीड; मनोरो.

pyre (n) सरण; सारी; चिता.

pyrene (n) गुठली; कोय.

pyrogenic (adj) हुनसाण, गरमी निर्मुपी.

pyrophobia (n) उज्या-भिरांत.

pyrotechnics (n) फोग; दारूकाम.

python (n) हार; एक मोटें जिवाणें.

pyx (n) निवेद्याचें आयदन.

pyxis (n) करण.

Q q

Q q रोमी अक्षरमालेचे सतरावे अक्षर.

quack (n) हायमाचो आवाज; कैकैक आवाज; ▯ ढोंगी वैद्य; गावठी वैद्य; ▯ ठक; • (v) कैकैक आवाज करप; बडबड्न गावप, ▯ वैद्य म्हणून बतावणी करून फटोवप; ठकोवप; लोकाक शिगा लावप; • **quackery** (n) फटाकरी वैद्यकी.

quadragenarian (n) चाळीस सावन एकूणाव्वास पेन वर्सां प्रिरावची व्यक्ती.

quadrangle (n) चौकोन, चतुष्कोन; ▯ चौकोनी पाकार; चौकोनी आगण, चौपट; चौक.

quadrilateral (n) चार कडांची आकृताय, वस्त, चौकोन.

quadruped (n) चार पायाचो प्राणी.

quadruple (adj) चौपट; चार पटींनी व्हड; • (v) चौपट करप; चार पटींनी वाडोवप.

quadruplet (n) एकेच फावटी जल्मल्ल्या चौघांतलें एक; ▯ एकेच जातीच्या चार वस्तूंचो पुंजो; चौकडी.

quadruplicate (n) एकाच मजकुराच्यो, जिनसाच्यो चार प्रती काडप.

quaff (n) व्हडलो घोट; • (v) गटगट पियेवन पेलो रितो करप.

quagmire (n) खातोण; रेबकोंड; • **to be in a quagmire** अडचणींत, घुसपणेंत सांपडप.

quail (n) एक शेवगें; लवो; • (v) काचवेवप; भियवप; धैर्यबिगर जावप; गळसणप; भिडेवप.

quaint (adj) विक्षिप्त; विक्षिप्तपणाक लागून ध्यान ओडपी; हांसपाक येवपासारको; मौजेचो; कुशळ.

quake (v) (भयान वा शिंयान वो) कुडकुडप; थरथरप; कडकडप; ▯ भुयकाप जावप; • (n) कुडकुडो; थरथरो; कडकडो; ▯ भुंयकांप, धरणीकांप.

qualify (v) गूण वा खाशेलपण सांगप; ▯ विशेशण लावप; शेरो मारप; ▯ पात्र जावप; योग्य थारप; ▯ भूमिकेंत इल्लो इल्लो बदल करप; ▯ अट दवरप; ▯ परिक्षा पास जावप; योग्यताय जोडप; • **qualification** (n) योग्यताय; पात्रताय; ▯ पदवी; अर्हता; ▯ अट; ▯ भूमिकेंत मातसो बदल; • **qualifications** (n) शिक्षणांक पदव्यो; • **qualified** (adj) योग्यताय, पात्रताय आशिल्लो; पदवी प्राप्त केल्ल्या असो; ▯ अट घाल्ली (मान्यताय); सशर्त; ▯ मर्यादीत.

quality (n) कस; कसवटणी; ▯ दर्जो;

पांवडो; जात; □ गुणधर्म; लक्षण; सैम; सभाव; प्रकृती; □ योग्यताय; • **qualitative (adj)** गुणांविशींचो; गुणांसंबंदींचो; • **qualities (n)** आंगचे गूण; सभावगूण.

qualm (n) विकल्प; मनांत खाल्ल्याची भावना; पातकाची भिरांत; दुबाव; अनमनणी; मनांतलो दुगदूग; □ चकनळ; ओंकारी.

quandary (n) कितें करचें तें समजना अशी अवस्था; दुबाव; पेंच; त्रांगडें.

quantity (n) प्रमाण; संख्या; रास; • **quantitative (adj)** संख्यात्मक; राशी संबंधीत.

quantum (n) धारावीक प्रमाण; मात्रा; गरज तितलें माप; • **(adj)** मोटो; अचकीत.

quarantine (n) (घो) क्वोरंटीन; संसर्गरोध; भायल्यान आयिल्ल्यांनी वशा-पिडा हाडची न्हय म्हणून तांकां कांय दीस वेगळे दवरुपाची सुवात; वेगळे दवरुपाचो काळ; • **(v)** कांय काळ कुशीक दवरप.

quarrel (n) झगडें; लडाय; रण; □ **(v)** झगडप; खोडी काडप; वादावादी करप; तोंडाक लागप; • **quarrelsome (adj)** झगडाळ; किजिली.

quarry (n) जाचे फाटीक शिकारी सुणे वा पक्षी लागल्यात असो प्राणी; □ चिरेखण; टांक; □ म्हायतीन भरिल्लें भांडार; • **(v)** खणींतल्यान फातर काडप; □ पुस्तकांतल्यान सार काडपं.

quart (n) गॅलनाची चवथाय; पाव गॅलन; 1.14 लीटर.

quarter (n) चौथाय; चौथो वांटो; पाव; □ तीन म्हयन्यांचो काळ; □ दिशा; वाटार; □ वाडो; वसती; • **quarters (n)** रावपाची सुवात; रावतिका.

quartermaster (n) जवानांची रावतिका, अन्न, कपडे बी हांचो जाळवणदार.

quartet (n) गायन करतल्या वा वाजयतल्या चौगांचो पंगड; ह्या पंगडापासत रचिल्लें गीत वा संगीत; चौकडी.

quartz (n) (घो) क्वार्ट्झ; एके तरेचो घडयाळींनी बी वापरपाचो आरपार फातर; स्फटीक.

quash (v) (कायद्यान) रद्द करप; नूल करप; □ (चळवळ बी) बळ वापरून चिड्डप, मोडून उडोवप.

quasi (adv) लागींलागीं; जसो कितें; उणो अदीक; जिस्त; तथाकथीत; दिसूंक तसोच; हुबेहूब; प्रमाण; भाशेन; (जनावरा)वत.

quatercentenary (n) चारशांवो वाडदीस; चारशीं वर्सां उलगल्ल्याचो सुवाळो.

quaver (v) कांपप; थरथरप; थरथरावप; □ कांपत्या आवाजांत गावप; • **(n)** आवाजांतलो थरथर; कांपतो स्वर.

quay (n) बोटींचो धको; होडीं लागपाचो कांठ.

queasy (adj) (खाणजेवण) चकनळावपी; जड; अजिन्नाचें; सयसुवाद नाशिल्लें; • **queasy stomach (n)** खाण पचना असो कोठो; • **queasy conscience (n)** पातकाभिरांतेचें अंतस्कर्ण.

queen (n) राज्य चलोवपी राणी; □ (नांवाची) राणी, सम्राज्ञी, म्हाराणी; राजपत्नी; □ व्हड नामना जोडिल्ली बायलमनीस, वस्त वा सुवात; □ कांय किड्यांची, जिवांची मादी (मूस, मूय बी); □ बुद्धीबळांतलो वजीर; • **queen consort (n)** राजाची बायल; पट्टराणी; • **queen dowager (n)** राजाची विधवा; भायर पडिल्ल्या राजाची बायल; • **queen mother (n)** राजमाता; • **queenly (adj)** राणयेक सोबसारको; राणयेभाशेन.

queer (adj) विक्षिप्त; आगळो-वेगळो; सामान्याभायलो; □ तिरसुवाद; कोल्ली; • **(v)** इबाडप; मोडटो घालप.

quell (v) दामून उडोवप; चिड्डप; चेपप; पिसडप; (बंड बी) मोडून घालप; • (राग, भंय) थंडावप; थातारप; शांत करप.

quench (v) (तान) भागोवप; (उजो) पालोवप; (ओग) थंडावप; शांत करप; थंड करप.

querulous (adj) पिरंगुपी; शिणपी; फडफडपी; झगडाळ; तिडपी; शिघ्रकोपी.

query (n) (गंभीर घडणुकेसबदीत) प्रस्न; वासपूस; चौकशी; □ प्रस्नचिन्न; □ (सांगला ताचेवयर) दुबाव; • **(v)** प्रस्न करप; विचारप; दुबाव परगटावप.

quest (n) तपास; सोद; वासपूस; चौकशी; मोहीम; □ सोदून काडचेलो वस्त; गजाल; • **(v)** सोदप; शिकारेक, सावदाचे भोवडेक (कासाक) वचप.

question (n) प्रस्न, सवाल; वासपूस; □ पेच; समस्या; □ दुबाव, • **(v)** प्रस्न करप; विचारप; वासपूस करप; दुबाव परगटावप; • **questionable (adj)** दुबावाचो; भरवसो दिवं नजो असो; वादाचो; • **questioner (n)** प्रस्न विचारपी; • **questionnaire (n)** प्रस्नावळ; प्रस्नमाळ; • **question mark (n)** प्रस्नचिन्न.

queue (n) रांक; हार; रस्त; ओळ; पंगत; प्रतिक्षावळ.

quibble (v) उलोवपात घुसपावप; वितंडवाद करप; मूळ मुद्दो सोडून उतरांचो कीस काडप; हुज्जत घालप; सात-पांच करप.

quick (adj) बेगीबेगीन (चलपी बी); घडघडीत, सडसडीत, तत्काळ (काम करपी बी); • **(n)** नाखटाचें भितल्लें मांस; □ मर्म; मर्मस्थळ; • **(adv)** बेगीन; धांवीधांवी; • **quickly (adv)** सट करून; वेगीं; झटपट; तत्काळ; बेगीन; • **quickness (n)** चपळाय; गती; वेग; • **quicksand (n)** सदळ, उदकाळ रेंव, जी तिजेर चलतल्यांक, व्हड्यांक बी भितर ओडटा; • **quick-tempered (adj)** रोखडोच तापपी; फडफडो; जाका राग येवंक वेळ लागना असो; • **quick-witted (adj)** हजरजबाबी; बुद्दीन शिटूक; चुरचुरीत उलोवपी; • **quicken (v)** बेगीन वचप; कितेय बेगीन करप; गती वाडोवप.

quicksilver (n) पारज.

quid (n) तोंडात दवरिल्लो बोळ (तंबाखूचो बी).

quid pro quo (n) देणेंघेणें; उपकाराचो परतफेड; लुसकान-भरपाय; □ बदलो; जशाक तशें दिवप.

quiescence (n) किण्ण; थंडाय; मौन; हालचाल ना अशी अवस्था; सुस्ती.

quiet (n) स्तब्धताय; शांतताय; शांत वातावरण; किण्ण अवस्था; • **(adj)** सस्त; शांत; किण्ण; थंड; • **quietly (adv)** मोन्यानी; अचळय; • **quieten (v)** शांत करप; निवारप; निस्तारप; शांत जावप; • **quietude (n)** गंभीरताय; शांतताय; स्तब्धताय.

quill (n) पांख; पीस; पांखाची शीर, पांखा-शिरेची लिखणी; □ बांसरी; मुरली; • **(v)** दोड घालप; रेवडावप.

quilt (n) पांगरूण; गोजडी; रजय; गादी.

quincentenary, quingentenary (n) पंचशती; पांचशावो वाडदीस; पांच शेंकडे उलगल्ल्याचो सुवाळो.

quinine (n) (घो) क्विनायन; मलेरियाचेर एक वखद.

quinquagenarian (n) पन्नास सावन एकुणसाठ मेरेन वर्सां पिरायेची व्यक्ती.

quinquennial (adj) पांच वर्सां रावपी, उरपी; पांच वर्सां उपरांत येवपी; पंचवर्सुकी.

quinquennium (n) पांच वर्सांचो काळ.

quinsy (n) (भिण्णांक फोड आयिल्ल्यान) ताळो फुलपाची पिडा.

quintal (n) (घो) क्विंटल; शंबर किलोग्राम.

quintan (adj) दर पांचव्या दिसा येवपी (जोर); चार दिसां उपरांत देंवपी चडपी.

quintessence (n) सार; आपरोस; सत्व; अर्क; □ (पुस्तकाचो) सारांश; तात्पर्य; पांचवी गजाल.

quintet (te) (n) पंचक; पांच कलाकारांचो पंगड (गावपी, वाजोवपी बी).

quintuple (adj) पांचपट; • **(n)** पांचपट संख्या.

quintuplet (n) एकेच फावटीं जल्माक आयिल्ल्या पांचांतलें एक.

quip (n) थोमणो; खेबाड; पियाद; दोट्टी अर्थाचें उलोवप; • **(v)** थोमणो मारप.

quire (n) 24 फोलींचो दस्तो.

quirk (n) दोट्टी अर्थाचें उलोवप; थोमणो; □ नीब; निमित्त; टाळाटाळ; □ चलाखी; □ खाशेलकाय; □ नशिबांतली लाग; □ सटक् करून मारिल्ली, बरयतना वा चित्र काडटना फर्र करून मारिल्ली ओळ.

quirt (n) चाबूक.

quisling (n) देशद्रोही; घरभेदी; दुस्मानाक मेळपी; फितुरी करपी.

quit (v) (नोकरी बी) सोडप; सोडून वचप; त्यागप; मेकळो करप; दोशांतल्यान सोडोवप.

quitch (n) लांब मुळां आशिल्लें तण.

quite (adv) पुराय; सामको; खंयांनी; खरोच; तोच.

quittance (n) बदल्याच्या रुपान वा पुरस्काराच्या रुपान पावोवचेलें पावोवन मेळयल्लो सुटकारो.

quitter (n) घेतिल्ली जबाबदारी अर्द्यार सोडपी; मनान दुबळो.

quiver (n) बाणांचो, तिरांचो भातो; • **(n)** कांपें; थरथरो; खपखप; • **(v)** कांपप; थरथरप; पांखां फडफडावप.

qui vive (adj) शिटूक; जागरूक; पाळटेर आशिल्लो.

quixotic (adj) वेव्हार कळनाशिल्लो; अवेव्हारी; अती परोपकारी; सपनांनी जियेवपी (**Don Quixote** वयल्यान).

quiz (n) प्रस्न; कुवाडें; प्रस्नोत्तरी; सामान्य ज्ञान परिक्षा; • **quizzical (adj)** कुवाड्याचो; □ हांसयणो; विक्षिप्त; □ तिडावपी (हांसो).

quoit (n) खुटयेर मोखपाची आटी (खेळांतली).

quorum (n) (घो) कोरम; गणपुर्ती; बसका चलोवंक कायद्याप्रमाण लागपी वांगड्यांची उपस्थिती.

quota (n) (घो) कोटा; वांटो; भाग.

quote (v) एकादऱ्यान उलयल्लें वा बरयल्लें देख म्हणून सांगप; □ उतर वा वाक्य उद्धरण-चिन्नांत घालून बरोवप; □ विकऱ्याचे वस्तीचो दर सांगप; • **quotable (adj)** सांगपासारको एकादऱ्याचो उलोवपा-बरोवपांतलो उतारो; • **quotation (n)** बरपांतलो उतारो; अवतरण; उद्धरण; दाखलो; • दर; मोल; • **quotation marks (n)** उद्धरण चिन्नां " ".

quotidian (adj) दिसपट्टो; दर दिसाचो.

quotient (n) एकादरे संख्येक भागले उपरांत येता तें उत्तर; भागाकार; निर्देशांक.●

R r

R r रोमी अक्षरमाळेचें अठरावें अक्षर.

rabbet (n) दाराचे वा फळयेचे कडेक मारिल्ले खाप (दुसरी फळी बसोवक); • **(v)** खांप घालप, मारप.

rabbit (n) सोंशाची एक जात; • **rabbit-hutch (n)** पोशिल्ल्या सोंशाचें घर; पांदरो.

rabble (n) लोकाचो जमो; खेट; □ बाकीक लोक; □ मानाय, वावगाडी बी लोक.

rabid (adj) खर; उग्र; □ हटी; हिंचण; कोल्ली; कट्टर; □ (सुणे) पिसावल्लें; जाका रेबीस रोग जाला अशें; • **rabies (n)** (घो) रेबीस; सुणे पिसावता तो रोग; पिसावल्ल्या सुण्याचे लाळेन मनशाक बी जाता तो रोग.

race (n) धांवपाची बी मर्त; स्पर्धा; होड; धांवाधाव; ताकतिकेचे प्रयत्न; □ उदकाची नेटाची धार; □ वंश; कुळी; विरी; • **(v)** धावप; पळप; धांवोवप; वेगान धावप; धावपाचें सर्तीत वाटो घेवप; झटपट उपाय घेवप; • **armaments race (n)** शस्त्रास्त्र स्पर्धा; • **racecourse (n)** (घो) रेसकोर्स; जंय रेस चलता तें मळ; • **racehorse (n)** रेसी-घोडो; • **race-track (n)** रेसींत घोड्यांचो धांवचेलो मार्ग; • **racer (n)** सायकल, मोटारसायकल, मोटार हाचे सर्तीत वाटो घेवपी; • **racial (n)** वंशाचो; वंशासंबंदीत; जातीचो; • **racialism , racism (n)** वंशवाद; दुसऱ्या वंशाविशीं उणाकपणाची भावना; जातीवाद; • **racialist, racist (n)** जातीवादी; वंश, जाती ऊंच-उणाक मानपी.

rack (n) (घो) रॅक; उकत्या खणांचो आरमार; □ चिकपियो बी दवरपाचो स्टँड; □ दांत-यांचो दांडो; □ गोळ्यातलो गवण; □ चिंतेन हुमक्यान खुचिल्लो मनीस; □ मनशाक यातना दिवपाचें यंत्र; • **(v)** त्रास दिवप; हाल करप; यातना दिवप; □ चड खंड घालप; चड खंड मागून भूंय कसतल्याक सतावप.

racket (n) वोवाळ; कलकलाट; चांचाळ; धुमशेण; □ मौज-मजा; चगळ; □ कामधंदो; वेवसाय; □ लोकाक भय घालून पयशे उबारपाची येवजण; नाडपाचो धंदो; □ चांडाळ-चौकडी; □ टेनिसाचें रॅकेट; □ बर्फार चलपाचें जोतें; • **racketeers (n)** व्यापार-धंद्याचें नाटक करून लोकाक नाडपी मनीस; आडमार्गान पयसो काडपी टोळी.

rack-rent (n) संद धरून कित्याकितेंय

फुगयल्लें भाडें.

racy (adj) ऊंच जातीचो; खेरीत गुणांचो; घरंदाज; रसरशीत; उमेदी; रग आशिल्लो; □ चुरचुरीत, मिचमिचीत (गजाल).

radar (n) राडार यंत्र; दुस्मानाचे हालचालीचो हवेच्या ल्हारांतल्यान हव घेवपी यंत्र; पयसुल्ले वस्तीचो हव घेवपी यंत्र.

radial (adj) किरणांचो; किरणांभाशेन; मदल्यान फांकारपी (टायराचे राय); • **radial tyre (n)** मार्गार निसरचे न्हय म्हणून खाशेली मांडणी केल्ले टायर; **radiance (n)** परजळ; चकचक; कांत; तेज; प्रभा; दिप्ती; • **radiant (adj)** परजळीत; किरणांभाशेन फांकारपी; उजवाडाचीं किरणां सोडपी; चकचकीत; तेजवंत; • **radiate (v)** उजवाडाचीं किरणां सोडप; ताप सोडप; • **radiator (n)** कुडींत ताप निर्माण करपी यंत्र; तापयंत्र; □ विमान वा मोटारीचें इंजीन थंड करपी यंत्र.

radical (adj) सामको मूळचो; मुळावो; निजाचो; बुनयादीचो; सभावीक; □ चड पुरोगामी; कट्टर सुधारणावादी; मुळासावन बदलूंक जाय म्हणपी; उग्र.

radio (n) रेडियो; आकाशवाणी; □ बिनतारी संदेश पावोवपी यंत्र.

radioactive (adj) क्ष किरण पातळावपी; • **radio therapy (n)** क्ष किरणांच्या आधारानं पिडेस्तांचेर केल्ले उपाय; • **radiologist (n)** एक्स रे किरणांचो विज्ञानी; एक्स रे चिकित्सक; • **radiology (n)** विकिरण-चिकित्साविज्ञान; • **radiotherapy (n)** एक्स रे उपाय-पद्दत.

radish (n) मुळो.

radium (n) (धो) रेडियम; एक मोलादीक धातू-प्रकार.

radius (n) राय; त्रिज्या; व्यासार्ध; वाटकुळाच्या बिंदूसावन घेराक तेंकता ती ओळ; हे ओळीची लांबाय.

raffia (n) ताड (झाड); ताडांच्या पिड्यांचीं वेळां (हांच्यो मांदऱ्यो, पांटल्यो बी करतात).

raffish (adj) गुंड; बदमास; तवनास; दुर्वर्तनी.

raffle (n) सोर्त; लॉटरी; □ कोयर, कचप; कचऱ्याची रास.

raft (n) लाकडां एकठावन केल्लें न्हंय हुपचेलें जंगल; तेरपो; तराफो (उदकांत तरपी).

rafter (n) (घराच्या पाख्याची) कातर; पाटी; वांसो; आडें; पाकासो.

rag (n) बोंदर; फाळी; तिसती; वादरी; □ उरिल्लो कुडको; मोल नाशिल्ली वस्त; □ कुसकूट; विद्यार्थ्यांनी फंडार्थ केल्ली कार्यावळ; खेतबागडीं; धुमशेणां; चांचाळ; • **(v)** तिडावप; सतावप; त्रास दिवप; फकाणांच्या नांवान छळप; हाल करप; दुसऱ्याच्या कुडींतल्यो वस्तू अस्ताव्यस्त करप; धुमशेणां कांडप; • **ragamuffin (n)** बोंदरां घाल्लो मनीस; पारपोळ, रस्ताद पोर.

rage (n) भिरभिरी; मस्तकाक गेल्ली तिडक; जाळ; □ तुफान; मोड; □ कींव; हुकी; ओड; खुरखुरी; कूय; तत्पुरतें पिशें (छंद); **(v)** चवताळप; खुबळप; तापप; आड्डप; □ उग्र रूप धरप; नेट धरप; वाडत वचप; पसवत वचप.

ragi (n) नाचणो.

raid (n) (धो) रेड; विमानांनी अचकीत केल्लो हल्लो; पोलिसांनी घाल्लो छापो, धाड; • **(v)** घुरी घालप; धाड घालप, पडप; □ लुटप; • **raider (n)** हल्लो करपी; छापो घालपी; □ लुटमारो.

rail (n) गरादीची लोखणी वा लाकडी पट्टी; दांडी; धांवाची आडी; □ रेल्वे रूळ; □ लोखणी जाळी; • (v) जाळी लावप; जाळयेन घेरप; • रेल्वेन सामान धाडप; □ निंदा करप; गाळी सवप; अद्वातद्वा उलोवप; • **railhead** (n) गाडयेचें निमणें स्टेशन; रूळ सोंपता ती मुखात; • **railway** (n) रेलगाडी; रेलगाडये-रस्तो; रेलगाडये रूळ; • **railing** (n) वंय; आड्डो; गराद.

rain (n) पावस; • (v) पावस पडप; शिवरप; □ शिवरावप; माग्गे करप; • **raincoat** (n) (घो) रेनकोट; • **raindrop** (n) पावसा-बेंबो; • **rainfall** (n) पडिल्लो पावस; • **rainy** (adj) पावसो; पावशी; • **rainy season** (n) पावसाळो; वर्षा ऋतू.

rainbow (n) इंद्रधनुश्य; इंद्रधणू.

raise (v) उठोवप; नीट उबो करप; ऊंच, वयर करप; □ जागोवप; उखलप; (इमारत) बांदप; निर्माण करप; उबो करप; (घरबो) वयर काडप; (गोरवां) पोसप; (धान्याची) पीक काडप; □ बड्डी दिवप; □ फंड उबो करप; जमोवप; □ (आवाज) वाडोवप; □ (हरकत) घेवप; (सकश्टावेळार आड्डी) मारप; □ (फौजेचो रेवाडो) काडून घेवप; □ (उमेद) वाडोवप; • (n) पगारवाड.

raisin (n) खिसमीस.

raison d'etre (n) प्रयोजन; कारण.

rake (n) मटकूल; दांतें; कयपूल; • (adj) लेंबडो; फोल्गाक संवकल्लो; • (v) एकठांय करप (तण, पत्रो वी); खरवडप; उस्तप; फारार फार सोडप; शिवर घालप; □ सोदप; फाटले वटेन लंवडप; लंबड्ल्लो आसप.

rally (n) (घो) रॅली; लोकांचो जमो; मेळ; वड सभा; उत्सव; संमेलन; मोटार-रॅली (सर्त); □ परतून भलायकी निवळप; आंगांत शक्त येवप; □ दरो परतून वाडप; □ सैन्याक परतून एकठावप; एकठांय जमा जावप; पालव दिवंक एकठांय जमप; □ परतून घटमूट जावप; कांच वा भंय वचप, ना जावप; □ शॅरांचे दर घसरले उपरांत परतून चड्डंक लागप; □ भगल्यो मागप; फकाणां करप; नकलां करप.

ram (n) मेंढगो; बोकडो; □ खुट्यांचें पेटणें; चिकंदर; • (v) माती, खडी धपट्टून भूंय घट बसोवप, धपटप; □ (सुर्गेंग) भरप; (बॅगेंत कपडे) गच्च भरप; □ आपटप; धपको दिवप; • **rammer** (n) खुट्यांचे वा मुसळांचें पेटणें; चिकंदर.

ramal (adj) खांदयांचो; देळ्यांचो; फांट्यांचो; • **ramification** (n) फांट्यांचो विस्तार; • **ramify** (v) फांटे फुटप; फांट्यांनी वांटप; • **ramose** (adj) कुचकुचीत ताळ्यांचो.

ramble (n) वेळ सारूक मारिल्ली पासय; □ अद्वातद्वा उलोवप वा बरोवप; भरभर; • (v) वेळ सारूक, मन रिजवणेपासत पासयेक वचप; मेकळेपणान भोंवप; □ अर्राबर्रा उलोवप; भरभरप; • **rambling** (adj) पासयेक वचपी; □ (भाशण) बडबड कर्शे; मुद्दो नाशिल्लें; भरभर कर्शे; □ (वाल) फांकारपी; वणटीर वा मेळटा ताचेर चडपी; □ मार्ग वांकडो-तिकडो.

ramp (n) (फेरिबोटींत बी वचूंक बांदिल्ली) देवण; पुलाच्या दोनूय पोंताकडेन आसता तें पालसण; • विमानांत चडपाची शिडी; इस्कादं; निसण; फेरिबोटींत वचपाचें रांप; • धात; नाडानाडी; • (v) (शिंवान बी) फाटल्या पांयांचेर उबें रावप; (मनशान) रागान खावं काय गिळूं करप; आड्डप; नाडप; वस्तूचें हिसपाभायर मोल घेवप; फटोवप.

rampant (adj) धरबंद नाशिल्लो; जाचेर अंकूश ना असो; जाचेमुखार कोणाचें चलना असो; आडांगी; मस्तो; सगल्याक पसवल्लो; व्यापक; जो आटापा येना असो; जाका आडवारूंक येना असो; □ चकचयाळ; कुचकुचीत भरिल्लो.

rampart (n) किल्ल्याची रुंद ऊंच वणत; राखणे-दुरीग; बुर्रीज; बुरूज; तट.

ramshackle (adj) बरगेल्लो; जर्जर जाल्लो; मोडूंक पाविल्लो; लडलडपी.

ramson (n) रुंद पानांची लसूण.

ranch (n) गोरवांचें फार्म (अमेरिकेंत बी).

rancid (adj) बासो; भेळसुटो; आंबटधंवट; खंवटेल्लो; • **rancidity (adj)** खंवटाण; भेळसुटाण.

rancour (n) दुवेस; किंवाटो.

random (adj) हाताक लागता तो; थारायनासतना, क्रम लक्षांत घेतले बगर काडिल्लो; चिंतिनासतना केल्लो; • **at random** असोच; मनाक मारता तसो.

range (n) (दोंगराची बी) रस्त; रांक; वळ; हार; □ पयसाय; आवाठ; □ विविधताय; □ तीर वा मोख कितली पयसाय गांठ्टा ताचो अदमास घेवचेलें मळ; तिरा-मळ; • **(v)** हारीन लावप; उबो करप; □ दुसऱ्यांआड उबो रावप; □ हेडप; भोंवप; • **ranger (n)** हेडपी; भोंवपी; • (घो) रेंजर; रानाचो राखणदार; वनपाल.

rank (n) हार; पंगत; मांडणी; क्रम; श्रेणी; वर्ग; पांवडो; स्थान; पद; प्रतिश्ठा; व्हडीक; • **(v)** रस्तीन मांडप; क्रम; श्रेणी दिवप; वळेरी करप; • **(adj)** (वाल बी) पसवपी; पातळपी; □ घाणयारो; कुसट्टाणीचो; □ पोजडो; □ अस्सल; • **(adv)** सामको; पुराय.

ransack (v) अस्ताव्यस्तपणान उस्तप; सोदपाखातीर हांगा-थंय उडोवप; □ लुटप; हातासप.

ransom (n) धरित्याक मेकळो सोडूंक मागिल्ले पयशे; मुक्तीधन; बंधनमुक्ती; • **(v)** धरिल्ल्याक पयशे दिवन सोडोवप; पयशे घेवन धरिल्ल्याक मेकळो सोडप.

rant (v) अर्थ नाशिल्ली भाशणबाजी करप; भाशण ठोकप; पोक्यो लात-बडायो मारप; □ व्हडल्यान वाचप वा गावप; व्हडल्या ताळ्यान आड्डप; • **ranter (n)** भाशणबाज; भाशणां ठोकपी.

rap (n) चिरपुटाचो टिकटिक आवाज; ल्हान आवाज; खटखट आवाज; □ कण; कूस; • **(v)** तापोवप; दबकावप; चिरपूट मारप; (दार) खडखडावप; (मेज) धाडावप.

rapacious (adj) अधाशी; वाखावाख; वसवसो; जितलें मेळटा तितलें लुटपी; लाटपी; भेश्टावन, दबकावन काडपी (पयशे); लुटमारो; □ मारकुरें (जनावर); • **rapacity (n)** सोस; वखवख; वसवस.

rape (n) बलात्कार; जबरी संभोग; अत्याचार; आगळीक; जुलूम; • **(v)** बलात्कार करप; लुटप; जबरदस्ती करप; नाशाडी करप; • **rapist (n)** बलात्कार करपी व्यक्ती.

rapid (adj) सडसडीत; झटपट; सट् करून केल्लो (वावर); ताकतिकेन केल्लें (काम); तत्काळ.

rapier (n) ल्हान तरसाद; तोपचेली कट्यार.

rapine (n) लूट; दरवडो.

rapport (n) सूरमेळ; सुमेळ; दाटी; बरे संबंद; आपलेपण.

rapprochement (n) (दोन राश्ट्रांमजगतीं) नव्यान इश्टागतीचे संबंद; परतून एकवट जावप; पुनर्मेळ.

rapt (adj) मग्न; तन्मय गुल्न; (खोशयेंन, दुस्खांत) बुडिल्लो; □ एकाग्र; कान दिवन आयकुपी.

rapture (n) खोशये-उमाळो; उपाट खोस; धादोसकाय; अत्यानंद; • **rapturous (adj)** धादोसकायेन भरिल्लो; खोशये उमाळ्याचो (साद).

rare (adj) दुर्मीळ; दुर्लभ; मेळ्ळेक कठीण असो; अपरूप; □ विरळ, पातळ; • **rarefy (v)** विरळ, पातळ करप; घनत्व उणें करप; निवळावप; • **rarity (n)** नवल; अपरुपाय; दुर्लभ वस्त.

rascal (adj) बदमास; कितेंय करपी; वायट (मनीस).

rash (adj) उळउळो; उतउतो; धार नाशिल्लो; भिरकेभरशीं कितेंय करपी; अविचारी; बेबंद; (गाडी वा) कशाकशी चलोवपी; • **(n)** आंगाचो पुळेर; • **rashness (n)** उतउतेपण; धरबद नाशिल्लें वर्तन.

rasp (n) खड कानस; कानशीचो आवाज; कर्कश आवाज; • **(v)** कानशीन घांसप; खरवडावप; □ कर्कश आवाज काडप.

raspberry (n) (पो) रासबेरी फळ; • **raspberry cane (n)** रासबेरी झाड.

rat (n) हुंदीर; □ भेदी; फितूर; घातमारो; पक्ष-त्यागी; • **(v)** प्रसंगा वेळार कूस मारप; पंगड सोडून वचप; • **rat poison (n)** हुंदरा-वींख; • **rat-race (n)** खर सर्त; • **rat-trap (n)** रातेर; हुंदरां-मानस.

rate (n) प्रमाण; □ मोल; दर; □ वेग; गती; □ वर्ग; पांवडो; • **(v)** दर थारावप; □ पांवडयार दवरप; □ मानप; समजप; □ भोवमान करप; □ तापोवप; दबकावप; • **rate-list (n)** दरपत्र; • **rating (n)** पांवडो; वर्ग; दर्जो; श्रेणी; □ एकादरे कार्यावळी संबंदान लोकाचे आवडीचो अदमास; □ दबकावणी.

ratification (n) उपचारीक मंजुरी; मान्यताय; पुश्टी; • **ratify (v)** (प्रतिनिधीन केल्ले कबलातीक) उपचारीक मान्यताय दिवप.

ratio (n) प्रमाण.

ration (n) रेशन; वांट्याक आयिल्लो शिदाव; • **ration card (n)** (पो) रेशन कार्ड; शिदाव-पत्र.

rational (adj) शाणो; बुदवंत; समजिकायेचो; सागसार येवजुपी; **rationale (n)** मूळ आधार; बुनयादी तर्क; • **rationalism (n)** बुद्दीवाद; तर्कवाद; • **rationalize (v)** तर्कसंगत व्याख्या करप; कित्याचोय बुद्दीच्या बळान सारको उपेग करप.

ratline (n) तारवाच्या कुंव्याक आडवी बांदिल्ली दोरी.

rattan (n) वेत (रेतावें).

rattle (v) खडखड, खणखण आवाज करप; जावप; (दार) खडखडावप; □ ताकतिकेन चलप, वचप; □ बडबडप; झांकत गवप; □ खळखळावप; खळखळप; □ भेशटावप; भियेवप; कांचवेवप; बाडगप; • **(n)** (भुग्ग्याचो) खिळखिळो; □ खडखड, खणखण, खळखळ आवाज; □ बडबड; झांकडी; भरभर; □ (मरणाचो) घरघर.

raucous (adj) घोगरो; फुटिल्लो; कर्कश (आवाज); कावळ्याचो खरखर (आवाज); □ जाचो आवाज बसला, पडला असो.

ravage (v) सामकी नाशाडी करप; उध्वस्त करप; पाड करप; • **(n)** लुसकान; इजा; **इबाड; • ravages (n)** नाशाडी; फोड-मोड; पाड अवस्था; विद्दाट.

rave (v) (जोर माथ्यार चडिल्लेभाशेन) उलोवप; मादान जावन उलोवप; रागान भान वगडावन उलोवप; आड्डप; □

वाऱ्याचें, दर्याचें गाजप; • **(n)** वाऱ्याची घोगेणी; दर्याचो गाज; □ नाटक, सिनेमाची अती तुस्त-तोखणाय; □ गाडयेंतली सुवात वाडोवंक भोंवतणी ऊंचमेरन लायिल्ली जाळी.

ravel (v) (गांठ, कुवाडें बी) घुसपण वाडोवप, वाडप; • **(n)** घुसपण; • **ravel out** घुसपण सोडोवप.

raven (n) एक कावळो; • **(adj)** काळो कुळकुळीत, तिकतिकीत; • **(v)** लुटप; सावदाचे सोदीक भोंवप; □ वखवख लागिल्ले भाशेन खावप; • **ravening (adj)** सामको उपाशीं; • **ravenous (adj)** उपाशीं; भुकेल्लो; वसवसलेलो; अधाशी; भकारो; □ वाखावाख, व्हरस लागिल्लो; अळार आयिल्लो.

ravine (n) दोन दोंगरांमदली खोल घळ.

ravish (v) व्हरप; घेवन वचप; उबारून व्हरप; अपहरण करप; □ बलात्कार करप; पवित्रताय भंगोवप; □ तुस्त करून प्रसन्न करप; धादोशी करप; भुलोवप; तनरेंत घालप; • **ravishing (adj)** भुलोवपी; ओडलायणो.

raw (adj) पिकूंक नाशिल्लो; हरवो; तरणो; धोडो; बोंडो; □ कच्चो, कारखान्यांत तयार जावचे पयलींचे अवस्थेंतलो (म्हाल); □ (कातीचो घाय) उकतो, जिवो, चुरचुरता तसलो; □ (मनीस) नेणार; अर्बट; वागपांत रीतरवीस नाशिल्लो; □ (जिनस) शिजोवंक नाशिल्लो.

ray (n) उजवाडाची तिरपी; किरण; झोत; □ (आशेची) तिरपी; • **(v)** फांकारप; पसोवप.

rayon (n) (धो) रेयन; कृत्रीम रस्म; सेद; सिल्क.

raze (v) (इमारत बी) मोडून घालप; मातयेभरवण करप; (उज्याचे बी) भकीक पडप; □ फासून उडोवप.

razor (n) (धो) रेझर; वाखर.

reach (v) (कितेंय काडूंक बी) हात लांब करप; पावप; पावोवप; वाडोवप; मेळोवप; फांकारप; • **(n)** आवाको; आवाठ; आटाप; थाव; तांक; हाताचें, लागींचें अंतर.

react (v) प्रगतीचे आड वचप; फाटल्यान सरप; □ प्रतिक्रिया परगटावप; दाद दिवप; जबाब दिवप; □ उरफाटो परिणाम करप; • **reaction (n)** प्रतिक्रिया; परिणाम म्हण केल्ली वा जाल्ली करणी; • **reactionary (adj)** प्रतिगामी; उदरगती आड वचपी, रावपी; परंपरेक धरून रावपी.

reactivate (v) (बंद गजाल) परत चलोवप; नव्यान चालू करप; वावराक परतून गती हाडप.

read (v) (आपणाक समजूंक) वाचप; (दुसऱ्याखातीर) वाचप; वाचून दाखोवप; □ (मन) समजप; कळप; (बरो-वायट) अर्थ लावप; • **readable (adj)** वाचूंक बरें वा सोपें; कळसारकें (अक्षर); • **reader (n)** (पुस्तकां बी) वाचपी; (दिसाळ्यांचो बी) नित्याचो वाचपी; □ पाठ्यपुस्तक; विद्यार्थ्यांचें वाचन-पुस्तक; □ विद्यापिठांतलो प्रपाठक (रीडर); • **readership (n)** वाचप्यांची संख्या; वाचकवर्ग.

readdress (v) (पत्र वा चिटयेवयलो) नामो बदलप; दुसरो पत्तो बरोवप.

readiness (n) तयारी; (वावर करपाची) उमेद, खोस; • **ready (adj)** तयार; रूजू; हाजीर; राजी; □ आयतो; • **readymade (adj)** शिंविल्लें वस्त्र; तयार केल्ले (कपडे).

readjust (v) नव्यान, परतून जुळोवप.

reaffirm (v) अगत्यान सांगप; ठामपणान व्यक्त करप.

real (adj) खरो; खरेपणाचो; अस्सल; जो आसा तसो; सत; वास्तवाक धरून आशिल्लो; • **realism (n)** वास्तववाद; यथार्थवाद; अस्तित्ववाद; • **reality (n)** सत्य परिस्थिती; आसा ती स्थिती; • **really (adv)** खऱ्यानीच; खरेपणान्शीं; खरेंच तर; • **real estate (n)** वेवसाय म्हणून जमीन, घरां बी; • **realization (n)** जाण; जाणविकाय; बोध; गिन्यान; □ पूर्णताय; □ (वसुलेची वा विक्रेची) येणावळ; सिद्धी; • **realize (v)** जाण येवप; गिन्यान जावप; समजिकाय मेळप; □ वावर वा इत्सा तडीक पावप, पावोवप; □ (विकिल्ल्याचे) पयशे घडप, घडोवप.

realm (n) राज्य; राजवटकी; मालकेचो वाटार.

ream (n) (घो) रीम; रेम; 480-500 फोलींचो पेळो; • **(v)** (पत्र्याचो वा प्लेटीचो) बुराक छेद वा व्हडलो करप; • **reamer (n)** बुराक व्हडलो करपाचें उपकरण.

reanimate (v) परतून जीव भरप; सजीव करप; मरपाणार हाडप; • **reanimation (n)** पुनरुज्जीवन.

reap (v) लुवप; □ (केल्ल्याचें) फळ मेळोवप; पानवळ भोगप; □ (उत्पन्न) काडप; (फायदो) जोडप, • **reaper (n)** लुवपी; □ लुवणे-मिशीन.

reappear (v) नव्यान दिसप; दुसर परगटप.

reappoint (v) परतून नेमप; • **reappointment (n)** पुनर्नियुक्ती.

rear (n) फाटली वट; मागिलदार; □ फाट; पोंद; □ सैन्याची फाटली बाजू; • **(v)** निर्माण करप; उबें करप; □ पोसप; जतनाय, उस्तवारी काडप; लहानाचीं व्हड करप (भुरग्यांक बी); □ रोवन काडप; □ (घोड्यान बी) फाटल्या खुरांचेर उबें रावप.

rearmament (n) पुनर्अस्त्रीकरण; अर्विल्ल्या शस्त्रांनी-अस्त्रांनी परतून सज्ज जावप.

rearrange (v) परतून नवे तेरेन मांडप, दाळप, लावप; नवी मांडणी करप.

reason (n) कारण; हेतू; प्रयोजन; इरादो; □ युक्त; तर्क; □ मत; बुद्दर; येवजुपाची तांक; विचार-शक्त; □ समजिकाय; • **(v)** तर्क करप; विचार करप; □ फोडणिशी करप; □ निश्कर्श काडप; □ युक्त वापरून समजावप; फोडणिशी करप; भासाभास करप; • **reasonable (adj)** समजिकायेचो; दुसऱ्याचें आयकून घेवपी; □ जो चड मागिना वा चड्याची आशा करिना असो; योग्य; फावोसो; सुमार; रजावाचो; • **reasoning (n)** कारण; तर्क; □ तर्क-वितर्क; भासाभास.

reassemble (v) (वेगळायल्ले भाग बी) नव्यान एकठावप; □ परतून एकठांय जमप; एकठांय जोडप.

reassure (v) नव्यान खेरेपण, खात्री दिवप; दुबाव, भय काडप; भरवंसो, धाकाय दिवप.

rebate (n) सूट; सोड.

rebel (n) विद्रोही; बंडवालो; • **(adj)** बंट; आटापा येनाशिल्लो; आपसुलाद; • **(v)** बंड करप; उठाव करप; विरोध करप; आड वचप; • **rebellion (n)** बंड; विद्रोह; राजद्रोह.

rebirth (n) पुनर्जल्म.

rebound (v) परतप; उसळून फाटल्यान येवप; □ केल्लें आंगार येवप.

rebuff (v) न्हयकार दिवप; ना म्हणप; मागणें, विनंती फापडून उडोवप; • **(n)** न्हयकार; फापुडणी.

rebuild (v) परतून, नव्यान बांदप;

पुनर्निर्माण करप.

rebuke (v) तापोवन काडप; दबकावप; सडीक दिवप; बोल लावप; उजरावन काडप; • **(n)** दूशण; बोल.

rebut (v) फट थारावप; फट म्हणून सिद्ध करप; • **rebuttal (n)** खंडण.

recall (v) (परदेसांत नेमिल्ल्या अधिकाऱ्याक) परतून आपोवप; काडून उडोवन देशांत येवंक फर्मावप; □ उगडास काडप; □ बातील, रद्द करप; • **(n)** परतून येवपाचो हुकूम; □ स्मरण; उगडास.

recapitulate (v) सार सांगप; थोड्या उतरांनी मांडप.

recapture (v) परतून जिखप; परतून आपल्या ताब्यांत घेवप; परतून धरप; □ नव्यान येवजप; उजळणी करप; उगडास करप; □ नव्यान अणभवप.

recast (v) नवें रूप दिवप; □ नाटकांतल्या पात्राक नवें काम दिवप.

recede (v) परतप; फाटीं सरप; □ (हुंवाराचें उदक बी) देंवप; □ पयसावप; □ (दर) देंवप.

receipt (n) येणावळ; येणें; प्राप्ती; उत्पन्न; वसुली; □ पावती; पोंच; • **receive (v)** घेवप; मेळप; रावप; □ भितर घेवप; □ येवकार दिवप; पावणार करप; • **receiver (n)** घेवपी; □ चोरयेचो म्हाल घेवपी; □ कायद्यान कित्याचोय ताबो घेवंक नेमिल्ली व्यक्ती.

recent (adj) हालींचो; नवसार; नवसो.

receptacle (n) आयदन; पात्र; वस्तू दवरपाची सुवात.

reception (n) येवकार; पावणार; सत्कार; स्वागत; □ येवकार सुवाळो; स्वागत समारंभ; □ येवकार दिवपाचें साल; □ (रेडियोचें बी) ग्रहण; • **receptive (adj)** आयकुपासारको; ग्रहणशील.

recess (n) सुटयेचो वेळ; शाळेंतली मदली सुटी; विसवाचो काळ; □ एकसुरी सुवात; कोनसो; खांच.

recession (n) (व्यापार-धंद्यांतली) मंदी; □ फाटीं सरिल्लो भाग.

recipe (n) (घो) रेसिपी; खाणा-जेवणाचे जिनस करपाची रीत; वर्णन; □ वखदाचें रेसेत.

recipient (n) (पुरस्कार बी) जाका मेळ्ळा ती व्यक्ती.

reciprocal (adj) परस्पर दिवपा-घेवपासंबंदीत; (कित्याय) बदला दिवपा-घेवपाचो; • **reciprocate (v)** दिवप-घेवप; आपसांत दिवप-घेवप; □ बदला दिवप; जबाब म्हण दिवप.

recital (n) काव्य-वाचन वा गायन; वर्णन; कथन; □ मोट्यान वाचप; □ एकोड्या कलाकाराची गावपाची वा वाजोवपाची कार्यावळ; • **recitation (n)** पाठांतर; तोंडपाठ म्हणप; व्हड आवाजान उजळणी; • **recite (v)** व्हडल्या ताळ्यान वाचप वा वाचून आयकवप; कविता व्हडल्या ताळ्यान पाठ करप; □ एक-एक करून सांगप.

reckless (adj) चिंतिनासतना, समजून घेनासतना वागपी; उतउतो; बेजबाबदार; हुसको-पर्वा नाशिल्लो; परिणाम लक्षांत घेनासतना- वर्तुपी; झंड; • **reckless driving (n)** अंदाधुंद चलोवप.

reckon (v) मेजप; गणटी करप; अंदाज लावप; अदमास करप; मानप; समजप; लेखप; पातयेवप; येवजप; निंबून रावप; • **reckoner (n)** गणक; हिशोब करपी; हिसबी; • **ready reckoner (n)** कोश्टक पुस्तिका; • **reckoning (n)** गणटी; मेजणी; अदमास; अंदाज; • **day of reckoning (n)** (क्रिस्तांवांत)

केल्ल्या कर्माचें पानवळ भोगचेलो दीस; केल्ल्या पातकांखातीर पच्छताप करपाचो दीस; पिराचिताचो दीस.

reclaim (v) सुदरप; बऱ्या मार्गाक लावप; उद्धार करप; व्यसनांतल्यान मुक्त करप; □ जमीन गेवंक तयार करप; □ वस्त परतून मागप वा घेवप; वस्त आपली म्हण दावो लावप; अधिकार मागप; • **reclamation** (n) मनशाचे सुदरप; उद्धार; □ इर्बाडल्ले जमनीची निवळावणी; नदयचे देगेर भरव घालून तयार केल्ली जमीन.

recline (v) वणखप; तेंकप; आधार घेवप; पातयेवप; आड पडप.

recluse (n) एकसुरी; एकांतांत रावपी व्यक्ती; साधू; संन्याशी.

recognition (n) (सम्बेकडल्यान, मरकायक डल्यान वी) मान्यताय; □ वळख; □ स्विकृताय; □ मान-भोंवमान; □ लक्ष; ध्यान; □ नमस्कार; अभिवादन; □ पावख; • **recognize** (v) वळखप; मानप; लेखप; पमत करप; समजप; सभावगूण पावखप; □ मान्यताय दिवप; • **recognized** (adj) मान्यताय-प्राप्त (संस्था).

recoil (v) फाटी सरप; आंग भितर घेवप; कचळप; भिडेवप; नाकाजी दिसप; आगार परतें येवप.

recollect (v) उगडास, याद करप; स्मरण करप; □ परतून एकठावप; साधाळून घेवप; (मनाक) भिटाय दिवप; • **recollection** (n) उगडास; याद; स्मरण.

recommence (v) परतून सुरू करप, जावप.

recommend (v) शिफारस करप; सुचोवप; गुणवर्णन करप; • **recommendation** (n) शिफारस; सुचोवणी; सल्लो.

recompense (v) बरे करणेपासत पुरस्कार, तसरीप दिवप; वायट करणेपासत स्यास्त लावप; □ नुसकान फारकाय करप; • (n) (करणी लक्षांत घेवन दिल्लो) पुरस्कार; इनाम; स्यास्त; □ नुसकान भरपाय.

reconcile (v) झगडें पामप, पालोवप; झगड्याउपरांत मेळ, मर्मजिकाय घडप, घडोवप; दुस्मानकाय विसरून इश्ट जावप; परिस्थितीकडेन जुळोवन घेवप; तडजोड करप.

recondition (v) सरी करप; दुरुस्त करून नवो कसो करप; □ जीर्णोद्धार करप.

reconnaissance (n) दुस्मानाचे माड्यावळीची खबर काडंक विमानान मारिल्ली फाबट; □ तेळणी; मुर्वची पळोवणी.

reconnection (n) नव्यान जुळोवणी; परतून जुळोवणी.

reconsider (v) (निर्णय बदलपाच्या संदर्भात) परतून विचार करप.

reconstitute (v) (समिती) नव्यान घडोवप; □ भाग जोडून परतून घडोवप; • **reconstitution** (n) नवी बांदावळ; पुनर्गठन.

reconstruct (v) परतून बांदप; पुनर्निर्माण करप; □ घडिल्लें परतून कल्पप.

record (v) बरोवन दवरप; नोंद करप; □ आवाज रिकॉर्ड करून दवरप; कार्यावळ रिकॉर्ड करप; • (n) नोंद; आदलो इतिहास; बरयल्लो हिशेब; □ यादस्तीक; □ (खेळ, वॉ कर्तृब हातूंत) गांठिल्ली ऊंचाय वा विक्रम.

recount (v) (सविस्तर) वर्णन करप; आयकवप; एक एक करून सांगप; □ (मतां) परतून मेजप; • (n) (मतांची बी) नव्यान मेजणी.

recourse (n) आलाशिरो; आधार; □ उपाय; साधन.

recover (v) वसूल करप; परतून मेळोवप;

□ भलायकी निवळप; (वायटांतल्यान) उठप; बरो जावप; गूण पडप; □ भानार येवप; • **recovery (n)** (दुडवांची) वसुली; □ पिडेक पडिल्लो गूण; भलायकेक सस्तताय; □ अर्थीक परिस्थितींत सुधारणा.

recreate (v) मनरिजवण करप; खोस मनोवप; ताजपाण, रसणाय हाडप; (जिवाक) विसव दिवप; सुशेग घेवप; □ नव्यान रचप; नव्यान घडप; परतून जल्मा हाडप; • **recreation (n)** मनरिजवण; सुशेग.

recriminate (v) हाणें ताजेर, ताणें हाजेर किचांटां बगलाटां घालप; एकामेकांक दूशण लावप; प्रत्यारोप करप; परत्याक परतें दिवप; • **recrimination (n)** एकामेकांचेर घाल्ले आळ, किचांटां; एकामेकांचें तोंडलागणें.

recrudesce (v) (पिडा, धाम बी) परतून उचकप; दुसर घडप; • **recrudescence (n)** परतून घडप.

recruit (n) (घो) रिक्रूट; भरती जाल्लो शिपाय; नवो शिपाय; संस्थेचो नवो वांगडी; • **(v)** फौजेंत, पक्षांत भरती करप; नव्या वांगड्यांक घेवप.

rectangle (n) काटकोनी चौकोन (जाच्या ओळींची एक जोडी दुसरेपरस व्हड आसता.)

rectification (n) संशोधन; चुकीची निवळावणी; सुदरप; • **rectify (v)** चुकिल्लें सुदरप; सारकें करप; निटायेर घालप.

rectitude (n) उजूपण; सरळपण; नितीचें वागणें.

rector (n) विद्यापिठाचो, म्हाविद्यालयाचो मुखेल अधिकारी (कांयकडेन); □ (इंग्लंडांत कांय कडेन) पाद्री.

rectum (n) मलाशय; आंतकडेचो निमाणो भाग.

recumbent (adj) वणखल्लो; आड पडिल्लो; पडून राविल्लो.

recuperate (v) वायटांतलो उठप; भलायकी निवळप, निवळावप; इबाडिल्ली परिस्थिती सुधारप; उणाव भरून काडप.

recur (v) परतून चर्चा करप; परतून याद करप; प्रस्न परतून उचकप, उपस्थित जावप; परतून घडप, जावप; • **recurrence (n)** पुनरावृत्ती; परतून घडप; • **recurrent (adj)** परतून घडपी (खर्च बी); परपरत येवपी (जोर बी).

red (adj) तांबडो; रगता-रंगाचो; • साम्यवादी; क्रांतीवादी; • **(n)** तांबडो रंग; • **red-handed (adv)** गुन्याव करतना (धरप); • **red letter day (adj)** सुवाळ्याचो दीस; शुभ-दीस; खोशयेचो दीस; • **red light (n)** संकश्टाची निशाणी; संकश्टाची पूर्वसुची दिवपी कुरू; • **red light area (n)** शिंदळकी चलता तो वाटार; • **red tape (n)** सरकारी दिर्गा; सरकारी कामांनी नेमांक लागून जावपी कळाव, घुसपण बी; • **redden (v)** तांबडो जावप, करप; रागान, लजेन बी तांबडो जावप; • **reddish (adj)** तांबसार.

redeem (v) (दुडू भरून वा कश्ट करून) वगडायल्लें परत मेळोवप; रीण फारीक करप; दुडू भरून घाणाक दवरलेलें सोडोवप; उतराक पाळो दिवप; वचनपूर्ती करप; बंद्याक मेकळो करप; □ पातकांतल्यान वाटावप; सोडवण करप; उद्धार करप; • **redemption (n)** रिणाची फारकाय; घाण दवरलेले वस्तीची सोडवण; □ पातकांतल्यान सोडवण; मुक्ती; सुटका.

redirect (v) (चीट) नव्या नाम्यार धाडप; पत्तो बदलून परत रवाना करप.

redolent (adj) वासाळ; घमघमीत; परमळीत.

redouble (v) नेट वाडोवप; दुपेट करप,

जावप.

redoubtable (adj) (दुस्मान) म्हाभयंकर; जबरदस्त; जाचेर जैत जोडूंक कठीण असो; अवको घेवपासारको.

redress (v) अन्याय निवारप; परतून जाग्यार घालप; लुसकान-भरपाय दिवप; उपाय करप; • **(n)** उपाय; इलाज (लुसकानाचेर).

reduce (v) लहान करप; सक्षिप्त करप; आंवळप; आंवळून येवप; वजन उणें जावप; घटप; पांवडो देवोवप; दुबळो करप; दुसरें रूप दिवप; • **reduction (n)** सूट; उणाव; घट; □ संक्षेप; लहान रूप.

redundant (adj) वरकड; गरजेपरस चड; निरर्थक; □ खूब चड; भरपूर; चकचयाळ.

reed (n) पेपारें; पिल्लूक; मुरली; नळी; □ बोरू.

reef (n) (वारें लक्षांत घेवन) शिडाचो आखूडूक येता तो भाग; □ उदकातलें खडप; दर्यातली खडपाची रस्त; □ भांगरा-कण आशिल्ली खणीतली शीर.

reek (n) दुर्गंध (लसूण, तंबाखूचो); उबसाण; कुजट वातावरण; □ धुंवर; वाफ; तोंडातल्यान भायर सरपी वाफ; • **(v)** वास (घाण) येवप; वाफ येवप.

reel (n) (घो) गेंळ; बिस्टीण; सुताची वी गाडी; फिल्माचें गेंळ; • **(v)** (सूत वी) गाडयेंक गुठलावप; रेवडावप; □ गिरगिरावप; लडबडप; लकत चलप; चिनारी आंयलें भायेन जावप; □ मतीन वा कुडीन गरगरप, हालप.

re-elect (v) (वांगडयाक) परतून वेंचून दिवप.

re-employ (v) नोकरेवयल्यान निवळायल्याक परतून कामार घेवप.

refer (v) संबंद लावप; कारण मानप; संदर्भ जोडप; मत घेवप; सल्ल्यापासत घाडप; उल्लेख करप; □ बँकेन चेक परत करप; • **referee (n)** (घो) रेफरी; अंपायर; परिक्षक; पंच; • **reference (n)** संदर्भ; संबंद; निर्देश; उल्लेख; प्रमाण-पत्र; वळख-पत्र.

referendum (n) जनमत कौल; लोकमत.

refill (n) (घो) रिफील (पेनाचें वी); रिती जाले उपरांत परतून भरून वापरपाची वस्त; • **(v)** परतून भरप.

refine (v) (खनीज, तेल वो) निवळ, शुद्ध करप; □ सुसंस्कारीत करप, जावप; □ सुधारप; • **refinery (n)** तेल वी शुद्ध करपाचो कारखानो.

reflect (v) (आवाजाचें, उजवाडाचें, तापीचें) परतवण करप, जावप; (हारणांत, उदकांत) पडबिंब पडप, दिसप, □ चिंतप; येवजप; • **reflection (n)** चिंतन; नियाळ; □ पडबिंब; □ परतवण; □ अभिप्राय; मत.

reflective (adj) धंड्साणीन चिंतपी; नियाळ करपी; मनन करपी; □ चिंतनांनी गुल्ल असो; विचारमग्न; □ (निबंद) विचारात्मक; □ परतवण करपी; परावर्तीत करपी.

reflex (n) दुसऱ्याक लागून मेळपी उजवाड, नामना वी; हारणांतलें वी पडबिंब; प्रतिक्रिया; प्रतीरूप; परतवण; • **reflexive (adj)** निजवाचक (सर्वनाम).

reform (v) सुदरप; नवें रूप दिवप; सुधारणा करप; □ (वायट चाल) बंद करप; सोंपोवप; □ नव्यान एकठावप; नव्यान मांडप; • **(n)** सुधारणा; • **reformer (n)** समाज-सुधारक.

refract (v) वांकडी गती दिवप; • **refractory (adj)** हटी; मस्तो; □ (रोग)

असाध्य; निवळचोना असो.

refrain (v) (कितेंय करपापासून) फाटी सरप; आपणाक आडावप; करिनासतना रावप; • **(n)** धृपद.

refresh (v) परतून ताजो, रसरशीत जावप; तरटटीत जावप; जिवाक जाल्लो शीण पयसावप; शितळ करप, जावप; घटाय दिवप; □ (उगडास) जागोवप; • **refresher (n)** जिवाक ताजपाण हाडपी पियेवचेलें; • **refresher course (n)** आदीं शिकिल्ल्याची नव्यान उजळणी; नवे रितीन आंखिल्लो अभ्यासक्रम.

refrigerate (v) थंड करप; थंडगार करप, जावप; • **refrigerator (n)** (घो) रेफ्रिजरेटर; जिनस थंडगार करपाची, दवरपाची विजेर चलपी बंद आरमार.

refuel (v) परतून इंधन, जळव, पेट्रोल घालप.

refuge (n) आश्रय; आलाशिरो; संकश्टांतल्यान राखण; □ राखणे सुवात; □ आश्रय दिवपी; आश्रयाची सुवात; • **refugee (n)** निर्वासित; शरणार्थी; आश्रयाक आयिल्लो; राखण मागपी.

refund (v) (घेतिल्ले पयशे) परत करप; आपल्यापासत दुसऱ्यान केल्लो खर्च फारीक करप; • **(n)** परती येणी रक्कम.

refusal (n) न्हयकार; मनाय; नापसंती; • **refuse (v)** ना म्हणप; न्हयकार दिवप; मान्य करूंक न्हयकारप; • **(n)** नाका जाल्लो जिनस; कचप; कोयर.

refute (v) (मुद्दो) खोडप; फट, चूक म्हणून सिद्ध करप.

regain (v) वगडायल्लें परतून मेळोवप, जोडप.

regal (adj) राजाक सोबसारको, फावसारको; राजेशाही (येवकार); घसघशीत; अपरूप; • **regalia (n)** राजाचो सरंजाम (सत्री, अब्दागिरां बी).

regale (v) पक्वान्नांचें जेवण घालप; पावणार दिवप; धादोशी करप; तृप्त करप; मनरिजवण करप.

regard (n) संबंद; नातें; □ लक्ष; ध्यान; □ मानभोवमान; आदर; भावार्थ; श्रद्धा; बरें मत; • **(v)** एकटक पळयत रावप; □ लक्ष दिवप; लक्षांत दवरप; मानप; समजप; चिंतप; □ संबंद, नातें आसप; • **regards (n)** शुभकामना; परबीं; नमस्कार; • **regarding (prep)** विशीं; संबंदान.

regatta (n) तारवांची सर्त (एक खेळ).

regenerate (v) नव्यान उर्बा हाडप; परतून जीव फुंकप; फुरफुरो हाडप; • **regeneration (n)** पुनर्जनन; नवो जल्म; उदर्गत.

regent (n) राजा वा राणी हांच्या नांवान राज्य चलोवपी व्यक्ती.

regicide (n) राजाची हत्या; □ राजाचो खुनी.

regime (n) राजवटकी; राज्य चलोवपाची रीत; प्रशासन.

regiment (n) (घो) रेजिमेंट; शिपायांचो जथो; • **(v)** संघटीत करप.

region (n) प्रदेश; प्रांत; वाटार; • **regional (adj)** थळावो; वाटाराचो; प्रदेशाचो; • **regionalism (n)** प्रादेशिकता; आपल्या प्रांतांपुरतें चिंतप.

register (n) (घो) रजिस्टर; नोंदपटी; □ कामकाजाच्यो म्हत्वाच्यो गजाली बरोवन दवरपाची पटी; □ (पेटयेंत) सुरावट ठाकठीक करपाची कळ; □ कितेंय छापतना सादिल्लो मुद्रणाचो मेळ; • **(v)** नोंद करप; टांचण करप; परिणाम करप; टिपप; □ पोस्टांत पत्र बी रजिस्टर करून धाडप; • **registered (adj)** (घो) रजिस्टर्ड; जाची

अधिकृत नोंद केल्या, नोंद जाल्या असो; □ रजिस्टर्ड (पत्र).

registrar (n) नोंदी करपी सरकारी अधिकारी; दाखले दिवपी अधिकारी; सरकारी दप्तर सांबाळपी अधिकारी; दप्तरी; निबंधक; □ विद्यापिठाचो कार्यदर्शी; कुलसचीव; • **registry (n)** सरकारी निबंधकाचें कार्यालय; सरकारी नोंदणी कचेरी (लग्नाची बी).

regress (v) परतप; फाटीं सरप, वचप; • **(n)** पडटो काळ; परते दीस; □ परतवण.

regret (v) खंत जावप; दुखख, पस्तावो जावप; पस्तावप; लावन घेवप; • **(n)** खंत; दुखख; पच्छताप; पस्तावो; मनस्ताप; • **regretful (adj)** दुखखी; खंतेस्त; पच्छताप करपी.

regular (adj) नित्याच्या वेळार जावपी; सदाचो; □ चालत; नेमान जावपी (सत्र); □ रितीन काम करपी, □ एकासारको; □ यथायोग्य; रीतरविशेचो, □ नेमाप्रमाण; ठाकठीक; □ (शिक्षणाची) पदवी आशिल्लो; वेवसायीक; □ ठायबसणेचो; □ सामको (बदमास); • **regulars (n)** सदाकाळापासत नेमणूक जाल्या अशे सैनीक; • **regularly (adv)** नित्यनेमान; योग्य वेळार; • **regularize (v)** (जें सारकें ना तें) निटायेर घालप; (जें कायद्यान ना ताका) कायदेशीर रूप दिवप; • **regulate (v)** नेमाक धरून चलोवप; नियंत्रीत करप; □ शिस्त लावप; □ (गती) गरजेप्रमाण चडोवप, दैवोवप, घटोवप; (खाणा-जेवणाचें पथ) बाळगप; (घडयाळ बी) सारकी लावप; • **regulation (n)** नेम; कायदो; थाराव; सुचोवणी; बदोबस्त; नियंत्रण; • **regulator (n)** नियंत्रक; यंत्राची गती सांबाळपी कळ.

rehabilitate (v) परतून ठांयबसणेर हाडप; परतून नेमणूक करून विसकटिल्ली घडी थीर करप; □ गुन्यावगाराक बरे चालीक लावप, मनशांत हाडप.

rehearsal (n) (घो) रिहर्सल; येसाय; तालीम; पुर्वाभ्यास; प्रशिक्षण; • **rehearse (v)** सविस्तर वर्णन करप; उजळणी करप; सुर्वेसावन शेवटामेरेन आयकवप; नाटकाची बी येसाय मारप.

reign (n) राजवटकी; राज्य; शासन; सरकार; □ राज्यकारभाराचो काळ; राजवटकेचे दीस; • **(v)** राज्य चलप; राज्य करप; राज्यकारभार चलोवप; □ शेक चलप; बळिश्ट जावप.

reimburse (v) (दुडू) परतून भरप; (दुसऱ्यान खर्च केल्ले पयशे) फारीक करप; • **reimbursement (n)** परतो भरणो.

rein, reins (n) लगाम; नियंत्रणाची दोरी, दोरयो.

reincarnation (n) नवो अवतार; □ पुनर्जन्म.

reinforce (v) मनीसबळ वा सामुग्री दिवन घटसाण दिवप; नेट दिवप; □ सैनिकांची संख्या वाडोवन फौजेचें बळ वाडोवप; नवे मुद्दे मांडून चर्चेत बाजू अदीक बळिश्ट करप; लोखण घालून शिमिट-कॉंक्रिटाक घटाय दिवप.

reinstate (v) (नोकरेवयल्यान काडिल्लो ताका) परत नोकरेर घेवप; परतून अधिकारार नेमप; □ नव्यान प्रतिष्ठापना करप.

reiterate (v) परतून-परतून सांगप; स्पश्ट करप; आपली बाजू परतून स्पश्टपणान मांडप.

reject (v) न्हयकारप; नाका म्हणप; काडून उडोवप; नामंजूर करप; नापसंत करप; • **rejection (n)** नामंजुरी; नाकारणी; □ भायरावणी.

rejoice (v) खोशी जावप, करप; □

परब मनोवप; • **rejoicings (n)** उत्सव; मौजमजा; खोस; धादोसकाय.

rejoin (v) परतून रुजू जावप; परतून मेळप □ प्रतिवादीच्या उत्तराक परतून जाप दिवप; • **rejoinder (n)** उत्तर; प्रत्युत्तर; जबाब; जापेक जाप.

rejuvenate (v) परतून तरणो जावप, करप; रसणायेन भरप; कायाकल्प करप, जावप.

rekindle (v) (उजो, दिवो) नव्यान पेटोवप; □ आशा परतून जागी जावप, जागोवप.

relapse (v) पिडा परतून बळप, जडावप; □ व्यसनांत परतून घुसपप; तीच चूक परतून करप.

relate (v) वर्णन करप; वर्णन करून सांगप; □ संबंद जोडप; संबंद आसप; नातें आसप; □ एकादरी घडणूक (अमक्या तमक्याचे) संबंदीत आसप; • **relation (n)** वर्णन; वृत्तांत; खबर; □ नातें; सोयरीक; संबंद; □ संबंदी; नातेवर्गी; सोयरो; • **relative (n)** नातेवर्गी; सोयरो; संबंदी; □ नात्यान लागपी; • **(adj)** सापेक्षी; • **relativity (n)** सापेक्षता; आयन्स्टायनचो सापेक्षता सिद्धांत.

relax (v) हातपांय सदळ सोडप; विसव, सुशेग घेवप; भार देंवोवप; धील करप; • **relaxation (n)** सुशेग; सदळसाण; धीलसाण; वेळ वचपाचें साधन.

relay (v) (खबर, संदेश, टीवी कार्यावळ) घेवन परतून वितरावप; एकलो पावता धंयच्यान दुसऱ्यान, दुसऱ्या उपरांत तिसऱ्यान अशी सांखळ घडप; □ परतून मांडप (रूळ); • **(n)** सांखळ; □ सहप्रसारण (केंद्र).

release (v) (बंधनांतलो) मुक्त करप; मेकळो करप; मेकळो सोडप; आडायल्ल्यांक वचूंक दिवप; □ (तीर, फार) सोडप; (हक बी) त्यागप; □ (पुस्तकाचें) विमोचन करप; उजवाडा हाडप; □ विमोचन, प्रकाशन; □ जाहीर कळोवणी.

relent (v) कळवळप; काकूट करप; कठोरपण उणें करप; कडकसाण त्यागप; • **relentless (adj)** कठोर; कडक; दया-माया नाशिल्लो; निश्ठूर; □ आडमेळ्यांक बाडगनाशिल्लो; □ निरंतर; लागून; ओखळ घेना असो.

relevance (n) संबंद; नातें; • **relevant (adj)** गरजेचो; प्रसंगाक फावोसो; हातांतल्या वावराक लागतो; संबंदीत.

reliable (adj) पातयेवपासारको; भरवंशाचो; खात्रीचो; • **reliability (n)** खात्री; भरवंसो; विस्वासूपण; खेरपण; • **reliance (n)** भरवंसो; भार; विस्वास; पातयेणी; आलाशिरो.

relic (n) (घो) रेलीक; पुजपापासत संत-महात्म्यांच्यो अस्थी वा खंयचीय वस्त; यादस्तीक; निशाणी; • **relics (n)** संतांची निर्जीव कूड; □ वास्तूचे भग्नावशेष; □ पुर्विल्या काळची एकादरी चाल.

relief (n) (कश्टांतल्यान, चिंतेंतल्यान) सुटका; मेकळीक; □ सुशेग; शांती; विसव; समाधान; पालव; आधार; □ उबारेची वा खोलायेची नक्षी काडपाची कला; • **relieve (v)** (कश्ट) उणे करप; निवारप; सुशेग दिवप; □ (चिंतेंतल्यान) मुक्त करप; पालव दिवप; आधाराक वचप; रिणांतल्यान मुक्त करप; □ घाल्लो घेराव काडप; सुटी दिवप; आपणें काम सांबाळून दुसऱ्याक मेकळो करप; □ फाटभुंयेचेर उठून दाखोवप; □ मुतूंक वा संडासाक वचप.

religion (n) धर्म; □ आस्तिकपण; □ लागणूक; • **religious (adj)** धर्मिश्ट; धर्मपरायण; आस्तिक; देवधर्म मानपी;

लागणुकेक पाळो दिवपी; धर्मासंबंदीत.

relinquish (v) (तावो, अधिकार) सोडप; त्यागप; □ (संबय) सोडप.

relish (n) सुवाद; घमघम; ओड; मौजा; आनंद; □ भूक वाडोवपी जिनस; मीठ-मसालो; चटणी; □ रूच; घोस्त; • **(v)** रुचीक, सुवादीक करप; गोडी चाखप; पसंत करप; खोस भोगप; आनंद मेळोवप.

relive (v) (एकादो प्रसंग वा घडणूक) येवजणेन नव्यान अणभवप.

reluctance (n) अनमनणी; अनिस्सा; • **reluctant (adj)** अनमनणी; इत्सा नाशिल्लो; खोशी नाशिल्लो; फाटीफुडें मरणी.

rely (v) पुरय भार, विस्वास, भरवंसो दवरप; पातयेवप; निंबून रावप.

remain (v) बाकी उरप; शेवटाक उरप; तागप; (घरा) रावप; (मनांत) उरप; (वस्त एकादेरे सुवातेर) उरप; • **remainder (n)** बाकी; उरिल्लो वांटो; शेवटाक जें उरता तें; • **remains (n)** उरिल्लो जिनस; □ पार्थिव कूड; अवशेष.

remand (v) न्यायालयान आरोपीक परतून पुलिसासुवादीन करप; परत धाडप; • **(n)** आरोपीक पुलिसाच्या ताब्यांत दवरूंक वाडोवन दिल्लो काळ.

remark (n) (बरयल्लें वा तोंडी) मत; शेरो; विचार; • **(v)** शेरो मारप; मत परगटावप; बारिकसाणेन पळोवप; • **remarkable (adj)** अजापाचो; असामान्य; अपरूप; नांव घेवपासारको.

remarry (v) पुर्नविवाह करप; नव्यान लग्न करप.

remedy (n) पिडेचेर खबद; वायट करणेचेर वा घडणेचेर उपाय; • **(v)** उपाय करप; सारकें करप.

remember (v) उगडास, याद करप; स्मरण करप; उगडासांत दवरप; मनींत हाडप;

• **remembrance (n)** उगडास; याद; स्मरण; □ स्मरणशक्त; □ यादस्तोक; निशाणी; • **remembrances (n)** दुसऱ्या मार्फतीन कळयल्ले प्रणाम, उगडास.

remind (v) उगडास, याद दिवप, करप; • **reminder (n)** उगडासा-चीट; स्मरणपत्र; सुचोवणी.

reminiscence (n) उगडास; याद; स्मरण; • **reminiscences (n)** फाटल्यां यादी.

remission (n) ह्यास्तेंत भगसणी; सूट; • **remit (v)** (पयशे) धाडप; □ ह्यास्त भगसप; सूट दिवप; • **remittance (n)** धाडिल्ले दुडू, पयशे.

remnant (n) उरिल्लो वांटो; जें उरलां तें; □ अवशेष; □ मणसाच्या ताग्यांतलो निमाणो कुडको (सवाय दोरेन काडून उडोवपाचो).

remonstrate (v) नापसंती परगटावप; खर विरोध व्यक्त करप; पसंत ना म्हणून सांगप; उजरावन काढप (तापोवप).

remorse (n) मनस्ताप; पस्तावो; पच्छताप; (वायट करणी केल्ले पासत) मनांत खावप; (मनांतली) कोरांतणी.

remote (adj) पयस; पयशिल्लो; पयस सुवातेर आशिल्लो; □ पुर्विल्लो; □ सामको वेगळो; □ अप्रत्यक्ष; □ मात पूण; इल्लोसो; □ एकसुरे; एकमुळे सुवातेर आशिल्लो; • **remote control (n)** (घो) रिमोट कंट्रोल; पयस रावन तावो, नियंत्रण.

remould (v) नवो आकार दिवन परतून घडोवप.

remove (v) काडप; काडून उडोवप; पयस व्हरप; पयस करप; (चाल) नश्ट करप; निखळावप; जितो मारप; हत्या करप; □ घर बदलप; रावतिका बदलप; दुसरेकडेन रावंक वचप; • **removable (adj)**

सुवातेवयलो हालोवं येता असो; निखळावंक जाता असो; दुसरे सुवातेर व्हरूं येता असो.

remunerate (v) केल्ल्या वावरापासत मोल, मजुरी, पगार वा तसरीप दिवप; • **remuneration** (n) वावराचें मोल; मजुरी; पगार; पुरस्कार; • **remunerative** (adj) अर्थीक लाव दिवपी; आदावाचो; फायद्याचो.

renaissance (n) नव-जागरण; साहित्य-संस्कृतायेचो नव्यान जल्म; • **Renaissance** (n) 14-15-16 व्या शेंकड्यांमदीं येवरोपांत जाल्ली विद्या-साहित्य-कलांच्या नव-जागरणाची चळवळ.

renal (adj) किडनीसंबंदीत.

renascent (adj) नव्यान उदेतो; वयर सरतो.

rend (v) तिसत्यो-वादऱ्यो करप; बोंदरां करप; चिरप; पिंजप; झोमून व्हरप; □ किळांच मारप.

render (v) बदल्यांत दिवप, करप; ओंपप; सादर करप; (अणकार बी) करप; • **rendition** (n) अणकार; भाशांतर; रुपांतर; □ सादरीकरण.

rendezvous (n) मेळपा-सुवात; मेळपाची कबलात, थारावणी; थारावणे उपरांतची भेट.

renegade (n) देसघातकी; फितूर; □ जें आपलें तें (देस, धर्म बी) सोडपी; आपलें सोडून दुसऱ्याक मेळपी.

renew (v) नवो वा नव्याभाशेन करप; पयलींभाशेन करप; ताजपाण हाडप; दुरुस्त करप; सरी करप; □ नव्यान सुरू करप; □ (परवान्याचो काळ) वाडोवप; वर्सपटी परतून भरप; • **renewal** (n) नविनीकरण; नूतनीकरण.

renounce (v) त्यागप; त्याग करप; सोडप; नातें तोडप; काडून उडोवप; न्हयकारप.

renovate (v) नवो करप; सरी करप; दुरूस्त करून नवोसो करप.

renown (n) नांव; नामना; फांक; व्हडवीक.

rent (n) कित्याचेंय भाडें; खंड; □ चीर; खांच; फुटाळ; • (v) भाड्याक दिवप; खंडाक लावप; • **rental** (n) भाड्याचे, खंडाचे पयशे.

renunciation (n) (अधिकाराचो) त्याग; संन्यास; सर्वसंग परित्याग; संवसाराचो मोह सोडप.

reopen (v) परतून उकतो करप, जावप; (चर्चा बी) परतून सुरू करप, जावप.

reorganization (n) नवी बांदावळ, रचणूक, घडण.

repair (v) दुरुस्त करप; इबाडिल्ली वस्त वा यंत्र सारकें करप; सुधारप; • **repairs** (n) दुरुस्ती.

reparation (n) इबाडलां तें निटायेर घालपाचो वावर; लुसकानाची फारकाय.

repartee (n) चुरचुरीत जाप; हजरजबाबीपण.

repatriate (v) परदेसी व्यक्तीक तिच्या देसांत परत रवाना करप.

repay (v) (पयशे) घेतिल्ले परते दिवप; परते फारीक करप; (रीण) पावतें करप; जें मेळळां ताचेबदला दिवप (माया, मोग बी); • **repayment** (n) परतफेड; भरपाय; फारकाय.

repeal (v) रद्द करप; बातील करप; नूल करप; काडून उडोवप (नेम, कायदो बी).

repeat (v) परतून करप; दुसरे फावट करप; तेंच काम परतून करप; तोंडपाठ

जावचें म्हणून मोट्यान वाचप; सांगप; म्हणप; आयकवप; (गणितांत) आंकडो परपरत येवप; परपरत घडप; • (n) दुसरे फावट केल्लो (खेळ, नाटकाचो प्रयोग वी); • **repeatedly** (adv) घडी-घडी, परतून-परतून; निस्सं-निस्सं; भोवन-भोवन.

repel (v) फाटल्यान धुकलप; पेट दिवन धांवडावप; आंगार येतल्याक आडावप; पयस दवरप; प्रस्तावाक, मागण्याक नकार दिवप; वीट दिसप; • **repellent** (adj) मनांत हळशिकेची भावना निर्मूंपी; किळस हाडपी; □ वासाक वी लागून बारीक जिवाक पयसावपी; • (n) पयसावपी जिनस.

repent (v) पस्तावप; मनस्ताप करप; पच्छ्ताप करप; खेदप; खंतेवप; • (adj) भुयेर पातळपी, पसवपी (वाल वी); • **repentance** (n) पस्तावो; पच्छ्ताप; • **repentant** (adj) पस्तावपी; पच्छ्ताप करपी; खेदपी.

repercussion (n) गाज; प्रतिध्वनी; आपटले उपरांत जावपी आघात; परिणाम; प्रतिक्रिया.

repertoire (n) (गायतल्याचो) गीत-संग्रह; गितां-भांडार; (नाटक कंपनीचो) नाटक-संग्रह; • **repertory** (n) जंय संग्रह आसा अशी सुवात; भांडार.

repetition (n) परतून केल्ली करणी; परतून घडिल्लो प्रसंग; पुनरावृत्ती; उजळणी; नक्कल; तेंच-तेंच म्हणप; • **repetitive** (adj) परपरत जावपी, घडपी.

replace (v) परतून जाग्यार दवरप; परतून दवरप; व्यक्ती वा वस्त बदलप; रिती सुवात दुसऱ्यांक घेवन भरून काडप; बदला बडटी दिवप.

replay (v) (मॅच) परतून खेळप; टीवीर वी खेळांतलो प्रसंग परतून दाखोवप; परतून वाजोवप.

replenish (v) (रिती सुवात) परतून भरप; • **replenishment** (n) भरण.

replete (adj) सामको भरिल्लो; उपाट जाला असो; चकचयाळ; तृप्त करपी; (रुचीक) माट हाडपी.

replica (n) लहान प्रतिकृती.

reply (v) जाप दिवप; उत्तर बरोवप, □ दुसऱ्यान केल्ले कृतीक कृतीन उत्तर दिवप; • (n) जाप; जबाब; उत्तर.

report (n) (घो) रिपोर्ट; वाको; नियाळ; अहवाल; □ खबर; बातमी; हूल; फाकाय; • (v) रुजू जावप; हाजीर जावप; □ खबर दिवप; तक्रार करप; □ वाको तयार करप; • **reporter** (n) (वर्तमानपत्रांचो) खबरेकार; बातमीदार.

repose (v) दवरप; (तकली उशार) दवरप; विसव दिवप, घेवप; आड पडप; पडून रावप; निंबून, पातयेवन रावप; □ विस्वास दवरप; भरवंशान रावप; • (n) विसव; शांती; थंडाय; □ धिटाय; • **repository** (n) वस्तू सुरू दवरपाची सुवात; आयदन; वस्तूसंग्रहालय; □ सामणाचें निर्देवें ठिकाण; सिमितेर; □ गुपीत पातयेवपासारको विस्वासू मनीस.

reprehend (v) दोश दिवप; तापोवन काडप; उजरावप; खर टिका करप; • **reprehensible** (adj) दूषण, बोल लावपासारको; वायट करणेपासत बोट दाखोवंक येत असो; • **reprehension** (n) दबकावणी; तापोवणी.

represent (v) व्यक्तीचें, वस्तूचें प्रतिनिधित्व करप; दुसऱ्याचो म्हणयारी, पडह्रात जावप; प्रतिनिधीपण करप; वर्णन करप; सादर करप; देख दिवप; □ प्रतीक, निशाणी जावप; • **representative** (n) प्रतिनिधी; पडह्रात; म्हणयारी; वकील; • **representation** (n) प्रतिनिधीपण;

□ अर्जी; निवेदन.

repress (v) अंदप; आंवळप; चिड्डप; चेपप; दामप; □ बळ वापरून चेपणाखाला दवरप (हातासकयल्यांक बी); • **repression** (n) छळ; घुस्मटमारांची करणी; केल्ले घुस्मटमार.

reprieve (v) भगसणी दिवप; ख्यास्त लांबणेर उडोवप; तत्पुरती बंद दवरप; उसरपत दिवप.

reprimand (v) (वरिश्ठान) चुकीपासत तापोवप; • (n) तापोवणी.

reprint (v) परतून छापप; नवी आवृत्ती काडप; □ दुसरी छापणी.

reprisal (n) बदलो; प्रतिकार; प्रतिहल्लो.

reproach (n) चुकीपासत वा एकाद्रे करणेपासत दूशण लावप; तापोवप.

reproduce (v) दुसरी प्रत काडप; नव्यान काडप; परतून उपजावप; • **reproduction** (n) नवो प्रसव; नवी उपज; परतून निर्मणी; □ नवी प्रत; नक्कल.

reproof (n) नापसंती; शिटकावणी; उतरांचो मार; खरडपट्टी; उजरावणी; • **reprove** (v) तापोवन काडप; दूशण दिवप; नापसंती परगटावप; चूक नदरेक हाडून दिवप; • **reproval** (n) नापसंती; तापोवणी.

reptile (n) सरपटत, घश्टत वचपी प्राणी; □ उणाक मनीस.

republic (n) गणराज्य; प्रजासत्ताक राज्य; प्रजातंत्र; प्रजेचें राज्य; • **Republic Day** (n) प्रजासत्ताक दीस.

repudiate (v) (बायलेक) सोडचीट दिवप; वाऱ्यार सोडप; त्यागप; संबंद तोडप; न्हयकारप; मानिना जावप; (रीण) फारीक करिना जावप; • **repudiation** (n) त्याग; संबंद तोडप; (रीण) फारीक करूंक न्हयकार.

repugnance (n) तिरस्कार; वीट; हळशिकेची भावना; किळस; • **repugnant** (adj) नाका दिसपी; तिरस्कार दिसपासारको; हळशिकावणो; मनांत वीट हाडपी; □ विरोधी अर्थाचो.

repulse (v) परतावप; फाटल्यान रेटप; धांवडावप; न्हयकारप; • (n) पराजय; हार; □ परतावणी; न्हयकार; • **repulsion** (n) तिरस्कार; वीट.

reputable (adj) बरे नामनेचो; प्रतिश्ठीत; मानेस्त; विस्वासू; प्रामाणिक; • **reputation** (n) (व्यक्ती वा वस्तूविशीं) लोकाचें चालंत मत; लोकाक दिसता तें; लोकांत नामना; • येस; कीर्त; बरी नामना; फांक; • बरी वा वायट नामना; • **repute** (n) नांव; नामना; फांक; • (v) नांव, नामना जावप; • **reputed** (adj) नांवादीक; नामना जाल्लो.

request (n) मागणें; गाराणें; प्रार्थना; • (v) मागप; मागणें करप; गाराणें घालप; प्रार्थना करप.

requiem (n) मेल्ल्याच्या आत्म्याक शांती मागपाखातीर प्रार्थना.

require (v) मागप; जाय जावप; गरज पडप; गरज आसप; फर्मावप; • **requirement** (n) मागणें; फर्मावणी; गरज; अपेक्षा; गरजेची अट.

requisite (adj) गरजेचो; जायच असो; • (n) जाय जाल्ली वस्त; गरज; अट; • **requisition** (n) मागणें; म्हालाखातीर ऑर्डर; फर्मावणी; • (v) (लोकाक) कामाक लावप; काम घेवप.

reroute (v) वेगळ्या मार्गान धाडप; व्हरप; मार्ग बदलप.

resale (n) विकतो घेतिल्ल्या म्हालाची परतून विक्री; • **resell** (v) विकतो घेतिल्लो म्हाल परतून विकप.

rescind (v) रद्द करप; बातील करप.

rescue (v) (संकश्टांतल्यान) वांचोवप, वाटावप, सुटका करप, सोडणूक करप; □ बंदखणींतल्यान बळाचो उपेग करून सोडोवप; जबरदस्तीन म्हाल सोडोवप; • (n) सुटका; सोडणूक; राखण; वाटावणी; वांचोवणी; □ बेकायदा सोडणूक.

research (n) सोद (घेवप); संशोधन (करप); अभ्यास (करप); • **researcher** (n) संशोधक; अन्वेषक.

resemble (v) रुपान, रंगान, आकृतायेन (दुसऱ्याभाशेन) आसप, दिसप, लागप; • **resemblance** (n) रंगाची, रुपाची, आकृतायेची सारकाय; बराबरी; साम्य; समानताय.

resent (v) वायट लागप, दिसप; मात पूण पसत नासप; मन कोडसाणेन, रागान भरप; लावन घेवप; • **resentment** (n) नाराजी; तिडक; राग; कोप; अपमानाची भावना.

reservation (n) राखण; आरक्षण; खाशेलो अधिकार; • **reserve** (v) राखून, सांबाळून दवरप; आरक्षण करप; • **reserves** (n) राखून दवरलेली रक्कम; साठो; राखून दवरलेली फौज; • **reserved** (adj) राखून दवरलेलो; आरक्षित; □ भिडस्त; मुवंतीचो; □ मरुख; मुमखो; • **reservoir** (n) साठो; तळी; उदकाची टांकी; □ भांडार.

resettle (v) परतून ठांयबसणेर घालप.

reshuffle (n) फेर-बदल; (मंत्र्यांची) नव्यान बांदावळ; • (v) इस्पिको परतून पेसप; परतून फेर-बदल करप.

reside (v) (घरांत) रावप; रावतिका करप; • **residence** (n) रावपाचें ठिकाण; रावतिका; बिराड; □ थारो; वसती; • **resident** (n) कामाचे सुवातेर रावपी; धळावो; • (n) रावपी व्यक्ती; घरवामी; • **residential (area, street)** (adj) जंय लोकाचीं आपापलीं घरां आसात अशो (वाटार, रस्तो); रावपाची वेवस्था आसा अशें (हॉटेल).

residue (n) बाकी उरिल्ल्यो वस्तू, संख्या बी; जें उरता तें; अवशेष; दायजांतल्यान आयिल्ले येणावळींतलीं रिणां फारीक करून, कर भरून बी उरता ती आस्पत; • **residuum** (n) (रसायण) तापयले उपरांत उरता तो जिनस, अवशेष; गाळ; □ तळाचो लोक.

resign (v) राजिनामो दिवप; सोडचांट दिवप; (नोकरी) सोडप; (अधिकाराचो) त्याग करप; □ (नशिबांत आसा तें) भोगप, सोंसप; • **resignation** (n) राजिनामो; सोडचीट; त्यागपत्र; □ सोंसणिकाय; • **resigned** (adj) आसा तातूंत समाधानी; संतुश्ट; आयलां तें भोगपी.

resilience (n) (रबरासारकें) लवचीकपण; □ परिस्थितीप्रमाण न्हान-व्हड जावपाचो गूण; परिस्थितीक टक्कर दिवपाचो गूण.

resin (n) (घो) रझीन; एक दीख; एक चिकचिकीत पदार्थ.

resist (v) तोंड दिवप; विरोध करप; प्रतिकार करप; (घुरी) आडावप; (नाका तें) घडपाक आडमेळें हाडप; □ मोह टाळप; तायणेपासून पयस रावप; • **resistance** (n) विरोध; प्रतिकार; असहकार; तोंड दिवप; आडमेळें; आडबारें; बादा; • **resistant** (adj) गूण पडूंक दिना असो; वखदाक बाडगा अशी (पिडा); आडावपी.

resolution (n) धाराव; संकल्प; निश्चय; □ (प्रस्नाची) सोडणूक; (दुबावाचें) निराकरण; • **resolute** (adj) जें करचें

थारायलां तें करपी; संकल्प तडीक पावोवपी; इराद्यान पक्को; तत्वाचो; अचल; थीर; • **resolve (v)** निश्चय करप; संकल्प करप; (सभेन) थाराव करप; □ (प्रस्न) सुटावो करप; बदलप; दुबाव काडप; नवें रूप घेवप; विसकावप; • **(n)** संकल्प; निश्चय.

resonance (n) आवाजाचो झणझण; प्रतिध्वनी; गाज; सुराचो झंकार; • **resonant (adj)** (आवाज) घुंवघुंवपी; गाजपी; घणघणपी.

resort (v) (उपाय म्हणून) आधार वा आलाशिरो घेवप; उपेगांत हाडप; (लोकान) नेमान वचप; • **(n)** विसवाचें, भोंवडेचें थळ; साधन, आधार म्हणून वापर.

resound (v) (आवाज) घुंवघुंवप; (घांटी) घणघणप; गजर जावप; गाजत रावप; • **resounding victory (n)** घणघणीत, गाजघडघडाचें जैत.

resource (n) कुशळताय; समजिकाय; साधन; • **resources (n)** सामुग्री; साधन-संपत्ती; गिरेस्तकाय; आस्पत; □ उपाय; युक्ती; • **resourceful (adj)** उमेदी; कुशळ; चतूर; □ साधन-संपत्तीन उपाट.

respect (n) मान; सन्मान; भोवमान; व्हडवीक; इज्जत; प्रतिश्ठा; □ संदर्भ; संबंद; विशय; □ ध्यान; • **(v)** मान-भोवमान दिवप; भोवमानान वागोवप; • **respectable (adj)** भोवमान्य; मानादीक; प्रतिश्ठीत; उजू चलणुकेचो; • **respected (adj)** भोवमान्य; भोवमानेस्त; • **respects (n)** प्रणाम; नमस्कार.

respective (adj) आपापलो; स्वताचो; जण एकल्याचो; • **respectively (adv)** क्रमान; अनुक्रमान; एका उपरांत एक असो.

respiration (n) श्वसन; स्वास; स्वास-उस्वास; दम; • **respire (v)** स्वास घेवप; स्वास घेवप आनी उस्वास सोडप; □ दम घेवप.

respite (n) मातसो सुशेग घेवपाचो वेळ; फुरसत; उसरपत; मेकळीक; थोड्या काळापुरती सुटका; • **(v)** ख्यास्त लांबणेर उडोवप; गुन्यावगाराक सूट दिवप.

resplendent (adj) लख्ख; लकलकीत; चकचकीत; दिप्तीवंत.

respond (v) जाप, उत्तर दिवप; उतरांनी वा करणेन जबाब दिवप; परिणाम जावप; प्रभावीत जावप; • **respondent (n)** जाप दिवपी; □ प्रतिवादी; उत्तरवादी; जाचेर फिर्याद चलता तो.

response (n) उत्तर; जाप; प्रतिक्रिया; • **responsive (adj)** (सरकार) जाप दिवपी; संवाद सुरू करपी; संवेदना आशिल्लो; □ (वखद) गुणाक पडपी.

responsibility (n) जबाबदारी; जापसालदारकी; दायकी; भार; पत्कर; • **responsible (adj)** जबाबदार; जापसालदार; भरवंशाचो; जबाबदारी आशिल्लो; पत्कर घेवपी; □ म्हत्वाचो.

responsive (adj) साद दिवपी.

rest (n) सुशेग; विसव; उसरपत; फुरसत; □ आधार; तेंको; धिगी; □ बाकी; जें शिल्लक उरलां तें; रेस्त; • **(v)** सुशेग घेवप; विसव घेवप; सस्तताय भोगप; वणखप; तकली तेंकोवप; आड पडप; पातयेवन रावप; • **restless (adj)** उचांबळ; उळउळो; अथीर; चिंतेस्त; हुसकेल्लो.

restaurant (n) (घो) रॅस्टोरंट.

restitution (n) शेणिल्लें, चोरयेक गेल्लें मेळ्ळे उपरांत धनयाक परतें दिवप; □ तुसकानाची फारकाय दिवन मूळ अवस्थेर हाडप.

restive (adj) अस्वस्थ; अशांत; बेचैन; कांचवेल्लो; घालामेल; सुवादीन नाशिल्लो.

restoration (n) जीर्णोद्धार; □ मालकाचें मालकाक दिवप; □ नव्यान भलायकेंचो लाब; • **restore (v)** परतें करप, दिवप; □ सरी करप; जीर्णोद्धार करप.

restrain (v) आडावप; ताब्यांत दवरप; शेक दवरप; संयमान काम करप; □ बंदखणींत दवरप; • **restraint (n)** नियंत्रण; आडावण; बंधन; मर्यादा; संयम; मैथा; अतितायेपासून सांबाळ, □ (विशेषणाक लागून) आडवाणी; हालचालीचेर घाल्लें बंधन.

restrict (v) शीम घालून घेवप; शिमेभितर दवरप; मर्यादा घालप; आडवारप; आडावप; • **restricted (adj)** शीम घाल्लो; मर्यादा घाल्यात अशो; मर्यादीत; • **restriction (n)** आडावणी; मर्यादा; बंधन; शीम.

result (n) (परिक्षेचो, मुलाखतीचो वी) (धो) रिजल्ट; निकाल; परिणाम; फळ; घडीत; उत्तर; • **(v)** परिणाम जावप, मेळप.

resume (v) (काम) परतून सुरू करप; (कामार) रुजू जावप; परतून स्वीकारप, घेवप; (बंद आशिल्लें उलोवप) परतून चालू करप; • **resumé (n)** सक्षेप; सारांश; तात्पर्य; • **resumption (n)** नव्यान सुरवात, आरंभ; परतून अधिकार ग्रहण; परतून कामार हजेरी; नव्यान तावो.

resurgent (adj) नव्यान उदेवपी; तरतरपी; फुर्डें सरपी.

resurrection (n) पुनर्जीवन; मेल्ल्याक नव्यान जिवीत (मेळप); अशें घडूं येता ही धर्मश्रद्धा; • **Resurrection (n)** जेजूच्या मरणा उपरांत तिसऱ्या दिसा तो नव्यान जिवो जालो अशें धर्ममत; हेपासत सुवाळो.

resuscitate (v) बेसूद पडिल्ल्याक सयराणार हाडप, साबुद्दीर हाडप; □ परतून चालू करप, जावप; • **resuscitation (n)** पुनरुज्जीवन; नव्यान प्रचलन.

retail (adj) किरकोळ; फुटकळ; परचुरन; चिल्लर; • **(v)** म्हाल किरकोळीन विकप; □ मीठ-मिरसांग लावन सांगप; विसकावन सांगप; वर्णन करप; • **retailer (n)** म्हाल किरकोळीन विकपी पसरकार.

retain (v) वस्त धीर दवरप; हालचिना अशी दवरप; आडावन दवरप; □ सुगर दवरप; ताब्यांत दवरप; उगडासांत दवरप; जाम्यार दवरप; जाम्यार आसप; कामार दवरप; □ वकिलाक ताचे फुडाराचे सेवेपासत बिदागी दिवन सांबाळप; • **retainer (n)** वकिलाक आपल्या वावराकडेन लग्गीक करूंक आदीं दिल्ली बिदागी; □ एकादऱ्या घराब्याचो जायतो काळ सेवेकार; □ यंत्राचो भाग हालचो न्हय म्हणून वापरपाचो चिमटो.

retake (v) (वगडायल्लें) परतून जिखप; परतून ताब्यांत घेवप; □ फिल्माचो शॉट परतून चित्रीत करप.

retaliate (v) जशाक तशीच जाप दिवप; खटी मोडप; अन्यायाचो बदलो घेवप; □ आरोप करतल्याचेर आरोप करप, आळ घालप; त्याच मापान फारीक करप; • **retaliation (n)** सूड; बदलो; प्रतिकार; परत्याक परतें; आगळीक करतल्याक सडीक जबाब.

retard (v) मंदाय जावप, करप; कळावान जावप, करप; फाटीं उरप; उदरगतींत आडमेळें येवप, घालप; उसरां येवप, जावप; • **retardation (n)** कळाव; मंदाय; • **retarded (adj)** मंद; सवकासायेचो; फाटसार.

retch (n) चकनळ; घवळ.

retention (n) सांबाळ; मतींत दवरपाची

तांक; □ आडावल्ली अवस्था.

reticence (n) सगलें सांगिनासतना कितें पूण लिपोवचेलो सभाव; मुमखेपण; मख्खपण; उणें उलोवप, • **reticent (adj)** मुमखो; मख्ख; जाणा पूण सांगिना असो; उणें उलोवपी.

retina (n) दोळ्यांतलो पड्डो.

retinue (n) परिवार; सांगाती लोक; नोकर-चाकर; फाटराखणे.

retire (v) (घो) रिटायर जावप; सेवेंतल्यान निवृत्त जावप; □ कडसरप; फाटीं सरप; आंग काडून घेवप; एकलोच बसूंक, भोंवंक वा न्हिदूंक वचप; • **retired (adj)** सेवेंतल्यान, नोकरेंतल्यान निवृत्त जाल्लो; • **retirement (n)** सेवा-निवृत्ती; □ एकांतवास.

retort (v) परत्याक परतें दिवप; आगळीक करतल्याक, नसती मस्करी करतल्याक कडक जाप दिवप; आंगलट घालप; • **(n)** लागसारकी जाप; खर जबाब; लिसांव.

retouch (v) (चित्र, फोटो अदीक बरीं दिसचीं म्हणून) नव्यान हात भोंवडावप; • **(n)** (सुदारपापासत) भोंवडायल्लो हात; संशोधन.

retrace (v) परतप; फाटीं सरप; प्रसंगाचो नव्यान उगडास करप; सुरवातीसावन परतून नियाळ घेवप.

retract (v) फाटीं घेवप; काडप; भितर ओडप; आंवळून, आंखडून घेवप.

retread (v) झरिल्ल्या टायराचेर नवो थर घालप.

retreat (v) (सैन्य) फाटीं घेवप; फाटीं सरप; □ एकांतांत रावप; • आलाशिरो; विसवाची सुवात; ध्यानाची बी एकसुरी सुवात.

retrench (v) (खर्च) उणो करप; काटकसर करप; नोकर-वर्ग उणो करप; काडून उडोवप; • **retrenchment (n)** खर्चांत काटकसर; खर्च उणो जावचो म्हणून नोकर-कपात.

retribution (n) बदलो; पानवळ; ख्यास्त; पारपत; • **retributive (adj)** बदलो घेवंक केल्लो; फावो तशी ख्यास्त दिवपी.

retrieve (v) सोदून हाडप; परतून मेळोवप; प्राप्त करप; परिस्थिती सुधारप; बरे अवस्थेर हाडप; केल्ली चूक सुधारप; जाल्लें लुकसान भरून काडप.

retrograde (adj) फाटल्यान वचपी; फाटीं घुंविल्लो; □ परिस्थिती इबाडपी; आदले वायट दशेर वचपी; परतो; उरफाटो; • **(n)** चरित्रहीन व्यक्ती; • **(v)** फाटल्यान वचप; देंवप; आदले वायट दशेर पावप.

retrospect (n) फाटल्या घटिताचो उगडास, तपासणी, चिंतन; जावन गेल्ल्याचेर विचार; फाटल्यान घुंवून पळोवणी; • **retrospective (adj)** फाटलें पळोवपी; फाटल्या काळाचो विचार करपी; फाटल्या घटितासंबंदीत; □ आदले खंयचेय तारखेपासून लागू जावपी; □ फाटलो; फाटले वटेनचो; • **(n)** एकादऱ्या कलाकाराच्या बी फाटल्या वावराचें दर्शन.

retrovert (v) फाटी घुंवप; फाटल्यान पडप.

return (v) मूळ पदार येवप; वावर परत सुरू करप; परत करप, दिवप; जशाक तसो वेव्हार करप; येणावळीचो हिशोब दिवप; निवाडो जाहीर करप; निर्णय सांगप; □ मतां मेळिल्ल्यान वेंचून येवप; फायदो दिवप; धन्यवाद दिवप; • **(n)** परतवण; परत येणें; • **returns (n)** येणावळ; उत्पन्न; प्राप्ती; फायदो; • **many happy returns of the day** शुभकामना; अनंत

काळापासत मागणें; हो दीस अनंत काळ येवं; • **returnable (adj)** परत करूं येता असो; • **returning officer (n)** निर्वाचन अधिकारी.

reunion (n) नव्यान मेळ; परतून एकवट; पुनर्मीलन; नातेवर्गी; इश्ट वा आदल्या सांगात्यांची मेळणी; • **reunite (v)** परतून एक जावप.

revamp (v) नवो करप; सुधारप.

reveal (v) (गुपीत बी) उकतें, उगडापें करप; (लिपयल्लें वा लिपून आशिल्लें) दाखोवप; (गळीत करप; परगटप.

revel (v) मौजा करप; धुमशेणां कांडप; घोमोळ घालप; पियेवन बोवाळ करप; फोल्गांनी वेळ आनी पयसो मोडप; • **revelries (n)** धुमशेणां.

revelation (n) उगडापी जाल्ली गुपीत गजाल; दोळे उकते करपी गजाल; जाग हाडपी घडणूक; नवी गजाल; नवें; □ दैवी साक्षात्कार.

revenge (n) सूड; बदलो; प्रतिघात; • **(v)** सूड, बदलो घेवप.

revenue (n) व्यापार-धंद्यापासून येणावळ; खंड; □ सरकारी उत्पन्न; सरकारी कर; म्हासुल; पटी; □ सरकारी म्हासुल खातें; येणावळी-खातें; हिसबा-खातें.

reverberate (v) आवाज घुंवपूंवप; झणझणप; गाजप; आवाज परतो घेवप; • **reverberation (n)** घुंवपूंव; झणझण; घणघण; गाज; प्रतिध्वनी; □ उजवाडाचें, तापीचें परावर्तन.

revere (v) पूज्य मानप; भक्तीभावान पुजप; श्रद्धा बाळगप; भोवमान बाळगप; • **reverence (n)** पूज्यभाव; श्रद्धा; भावार्थ; मान-भोवमान; आदर; • **Reverend (adj)** पूज्य; मानादीक (धर्मपिठांतलो वरिश्ठ).

reverie (n) सपनाळी दशा; तनगी; मनोराज्य.

reversal (n) उरफाटी स्थिती; परती अवस्था; (कार्यावळीची बी) दिशा उरफाटी करप; • **reverse (n)** उरफाटी, फाटलो, विरुद्ध बाजू; फाट; □ (धंद्यांत बी) मार; घसरण; हार; • **(v)** फाटल्यान व्हरप; उरफाटो करप; उमथप; • **(adj)** उरफाटो; उमथो; विपरीत; • **reversible (adj)** उरफाटो करूं येत असो; फाटीं घेवं येत असो; आरतो-परतो करूं येत असो.

revert (v) परतून मूळ सुवातेर वचप; परतप; मूळ पदार वचप; (आस्पत) मूळ धनयाकडेन वचप.

review (n) नियाळ; आलोचन; परतून विचार; • **(v)** नियाळ करप; फाटलो विचार करप; स्मरण करप; □ सैनिकी प्रदर्शनाचें निरिक्षण करप; पळोवणी करप; • **reviewer (n)** नियाळ, समिक्षा करपी.

revile (v) गाळी सवप, खेपप; बदनाम करप; निंदप.

revise (v) बदलप; सुधारप; संशोधन करप; उजळणी करप; पुनर्विचार करप; • **revision (n)** नियाळ; उजळणी; □ बदल; सुधारणा.

revival (n) (आस्त, उमेद बी) नव्यान जिवी उरपाची क्रिया; पुनरुज्जीवन; नवजागरण; पुनरुत्थान; (मना जाल्ल्यो चालो बी) नव्यान सुरू करप; • **revive (v)** परतून सयराणार हाडप; □ आस, उमेद बी जागीं करप; परतून फुलोवप; चालो परतून चालू करप; (खटलो) परतून सुरू करप.

revoke (v) फाटी घेवप; रद्द करप; बातील करप.

revolt (n) बंड; कूट; □ वीट; हळशीक; चकनळ; • **(v)** सत्तेआड बंड करप,

कूट करप; सत्ता परतप; • **revolution (n)** क्रांती; जैतवंत बंड; □ फेरो; भोंवाडो; प्रदक्षणा; • **revolutionary (adj)** क्रांतीकारी; बंडवालो; • **revolutionize (v)** मुळासावन बदलप; क्रांती करप.

revolve (v) (कित्याय भोंवतणीं) घुंवप; भोंवप; भोंवाडो मारप; प्रदक्षिणा घालप; घुंवडावप.

revolver (n) (घो) रिवॉल्वर; पिस्तूल.

revulsion (n) तिटकाऱ्याची भावना; घृणा; □ अचकीत फाटी सरप; पलटी.

reward (n) बरे वा वायट करणेचें फळ; □ तसरीप; पुरस्कार; इनाम; मुशारो; आदाव; • **(v)** संतोस दिवप; तसरीप, इनाम दिवप; बदल्यांत दिवप; कश्टांचें मोल दिवप; फळ मेळप; • **rewarding (adj)** करपासारको (वावर); आदावाची (जबाबदारी); वाचपासारकें (पुस्तक); समाधान, संतोस, खोस दिवपी (गजाल).

rewind (v) चक्राचेर परतून रेवडावप; (घडयाळीक) परतून चावी दिवप.

reword (v) दुसऱ्या उतरांनी सांगप, बरोवप; उतरां वा भास बदलप (तेंच सांगूंक).

rewrite (v) नव्यान, परतून बरोवप; दुसर बरोवप.

rexine (n) (घो) रॅक्झीन; नकली चामडें.

rhapsody (n) सगळें विसरायेर घालपी धादोसकाय; पुराय खोस; आनंदी-आनंद; कैफार हाडपी वाजप-गाजप; □ (एकेच वेळेन पुराय गावपाचें) व्हडवीक-गीत; तुस्त-गीत; □ अतितायेची तोखणाय.

rhetoric (n) आयकतल्याक वा वाचतल्याक भूल घालपी भास; उलोवपाचें वा बरोवपाचें कसब; वक्तृत्व; □ फकत उतरांच उतरां; उतरांचें मायाजाळ; □ साहित्यशास्त्र; अळंकारशास्त्र.

rheumatism (n) कसकस; वाय; सांद्यांची पिडा; सांद्यांदूख; धनुर्वात.

rhinoceros (n) गेंडो.

rhomb, rhombus (n) समचतुर्भूज; समभूज चौकोन (जातूंत काटकोन नासतात).

rhyme, rime (n) यमक; एकेच तरेच्या आवाजान सोंपतलीं उतरां वा कडवीं (हळडुवो ताल्ल बेबो, शेतामेरेर उबो; बेबो : उबो).

rhythm (n) (पदांत, संगितांत) लय; ताल; □ मेळ; सुमेळ; सूरमेळ.

rib (n) बर; (पानाची) शीर; (सत्रेची) सरी; लाकडाची पातळ कांब (पट्टी); शिरेभाशेन दिसपी वस्त; • **ribbed (adj)** पट्ट्यांचो; रिस्कांचो.

ribald (adj) जाच्या तोंडांत पोजडीं उतरां घोळटात असो; तोंडान बासकळ; पोजडें उलोवन मस्कऱ्यो करपी; फाजील.

ribbon (n) रिबीन; फीत; नाडी; तीर.

rice (n) भात; तांदूळ; • **husked rice (n)** तांदूळ; • **boiled rice (n)** उकडो तांदूळ; • **cooked rice (n)** शीत; गोटे; • **parched rice (n)** चिरमुल्यो.

rich (adj) श्रीमंत; दुडवांनी गिरेस्त; ताण; दुडवांकार; □ मोलादीक; □ (भूंय) पिकाळ; □ चकचयाळ; □ (रंग) लकलकीत; □ जातूंत वा जाका कांयच उणें ना असो; पुश्टीक; □ मौजेवंत; • **the rich (n)** पयशेकार लोक; • **riches (n)** गिरेस्तकाय; धन-दौलत; आस्पत.

rick (n) तणाचें गुडवें, कुडें.

rickety (adj) दुकळाक लागून उपास काडपी; बरीन बर दिसता असो; देहान दुर्बळ, जर्जर; □ (वस्तू; फर्निचर) लडलडपी; मोडूंक पाविल्लीं.

ricksha(w) (n) रिक्षा (वाहन).

rid (v) मेकळो जावप, करप; सुटका जावप, करप; कटकटींतल्यान सुटप; • **riddance** (n) मेकळीक; सुटका; सोडवण.

riddle (n) उमाणें; कुवाडें; रहस्य; कूट-प्रस्न; समस्या; सोंपेपणान समजनाशिल्ली गजाल; □ चाळण; • (v) कुवाड्यांनी उलोवप; कुवाडें सोडोवप, सुटप; □ चाळप; □ खूब बांधे घालप.

ride (v) वाहनाचेर, जनावराचेर बसून भोंवप; □ शेक गाजोवप; फाटीर बसप; □ सतावप; □ व्यापप; • (n) वाहनांतल्यान वा जनाव्राचेर बसून मारिल्ली फेरी, भोंवाडो; **rider** (n) घोडयार बसपी; घोडेसुवार; □ संशोधन; □ प्रस्न.

ridge (n) दोगुल्यांची रस्त; पर्वतमाळ; हार; □ घराचे पाडस; □ जोतले उपरांत शेतांत जाता ती मातये-शीर; □ कमलीय ऊंच आयिल्ली शीर.

ridicule (n) बचेन्यो; भगल्यो; बकच्छायो; मस्क-यो; □ हिणसावणी; • (v) दुसऱ्याक हांसप; किकांत लेखप; बकच्छायो करप; हिणसावप; • **ridiculous** (adj) मूर्ख; हासपासारको; पिसाय कसो; विक्षिप्त.

rife (adj) पसवलेलो; थे म्हण; जायतो; सगळें व्यापलां अशें; □ चालंत; □ भरिल्लो.

rifle (n) (घो) गयफल; तुबकाचो एक प्रकार.

rift (n) नील; खांच; घळ; फूट; □ वांकडेपण; बितुस्ट.

rig (v) सजोवप; नटोवप; नेसोवप; तयार करप; दवरप; □ शीड बांदून वो होडें सोडपाची तयारी करप; • **oil-rig** (n) तेलाची बांय.

right (adj) उजू; समा; सारको; नितीचो; □ वेवस्थीत; बरोबर; □ दर्शनी (वट); □ जथापथ; योग्य; □ भलायकेन बी बरो; □ उजवो; उजवे वटेनचो; उजवे कडेनचो; • (adv) जिस्त; बगबर; पुराय; जथापथ; उजव्यान; आतांच; ज्याज्या; • (v) सारको करप; सरी करप; सरळ करप; नीट करप; (अन्यायाचें) निवारण करप; जाग्यार घालप; • (n) जें खरें तें; नितीची बाजू; □ अधिकार; हक; □ उजवी वट; □ रुढीवादी पक्ष; दक्षिणपंथी; • **right arm** (n) उजवो हात (भरवंशाचो मनीस); • **right angle** (n) समकोन; • **right thinking** (adj) सारके चिंतपी; • **rights** (n) वस्तुस्थिती; खरी गजाल; • **righteous** (adj) उजू चलणुकेचो; प्रामाणिक; धर्मिश्ट; • **rightful** (adj) न्यायाचो; हकाचो; बगबर; खरो; अस्सल; • **rightly** (adv) सारको; बगबर; जाय तसो; फावो तसो; खरेपणान; • **righto!** (int) बरें बरें!

rigid (adj) बागवना, मोडना असो; कडक; निबर; तायट; वातड; □ कडवो; करडो; कर्मठ.

rigmarole (n) लांब भाशण; आयकतल्याक समजनाशिल्लें उलोवप; पाल्लाळ; भरभर.

rigorous (adj) कठोर; कडक; खर; चोख; शिस्तीचो • **rigorous imprisonment** (n) खर बंदखणीची ह्यास्त; • **rigour** (n) कडकसाण; खरसाण; निबरसाण; निश्ठुरपण; • **rigours** (n) उतळताप; तापत्रय; कडक साधना; दंडणावणी.

rim (n) वाटकुळ्या आयदनाचो कांठ; सायकलीच्या आट्याचेर टायर बसयतात ती सुवात; चक्राचेर चडयतात तो आटो, चाळणीचो पत्र्या-घेर; गिराणावेळार सूर्याभोंवतणी दिसता तें उजवाडाचें

चक्र-वलय.

rime (n) पळयात **rhyme**

rind (n) फळाची साल; झाडाचें भायलट; कित्याचोय दाट-बादड थर; कल्ल; सोल.

rinderpest (n) गोरवांची धाम; लाग.

ring (n) मुदी; मुद्रिका; □ कडें; चक्र; चाक; भोंवाडो; फेरो; उदकांतलो भोंवरो; सर्कशीचें आंगण; □ पंगड; गट; □ कांपीन; घांट; □ घांटीचो आवाज; झंकार; किणकिण; □ टेलिफोनाचे घंटेचो आवाज; • **(v)** मळबार घुंवप; फेरे मारप; भोंवतणी जमप; □ (घांट) घणघणप; घुंवघुंवप; (नाणें) खणखणप; गाज येवप; गाजप; (घांट) वाजोवप; □ फोन करप; • **ring finger (n)** मुदये-बोट; अनामिका; • **ringleader (n)** बंडवाल्यांचो फुडारी; □ चांडाळचौकडेचो दादा; • **ringlet (n)** केंसां-मुदी; मुदयाळो केंस; • **ringmaster (n)** सर्कशीचो मेस्त्री (सर्कशीच्या आंगणांतल्यान मार्गदर्शन करपी); • **ringroad (n)** शाराभोंवतणचो रस्तो; • **ringworm (n)** चरतें; दाद.

rink (n) (स्केटिंगाखातीर केल्लें) बर्फाचें मळ; बर्फाचो तळ.

rinse (v) (वस्त्र) झंझळावप; (शाब्बा वास वचूंक) धुल्लें वस्त्र निवळ उदकांतल्यान काडप; □ केंसांक लेव रंग लावप; □ घोंट घेवप; घोंट घेवन तोंड निवळ करप; • **(n)** झंझळावणी; □ केंसांक लावपाचो एक लेव रंग.

riot (n) (मार्गार बी) दंगो; मारामारी; झगडी; कुलकुलाट; □ अच्छेव; □ सांवार; □ रंगोत्सव; गुलालोत्सव; • **(v)** दंगो, मारामारी करप; धुमशेणां कांडप.

rip (n) व्यसनी; लापीट; फोल्गी मनीस; □ निकामी घोडो; □ चील; बोंथो; □ दर्या वा ऱ्हंयंतलो उदकाच्या खवदळाचो जागो; • **(v)** पिंजप; चिरप; ओडून टर्रा करून पिंजप; □ पिंजून, मोडून, फोडून उकतें करप; चिरून उकतें करप; □ वेगान, गतीन वचप.

ripe (adj) (फळ बी) पिकिल्लें, तयार, खावंक योग्य अशें; □ बुद्दीन, शाणपणान जाणटी (व्यक्ती); • **ripe age (n)** बरीच जाणटी पिराय; • **ripeness (n)** परिपक्वताय; बुदवंतकाय; समजिकाय; जाण.

ripple (n) सण पिंजारपाची दांतोणी; □ उदकावयलें ल्हान ल्हार; □ मिरी; खळी; □ व्हांवत्या उदकाचो झुळझुळ आवाज; ल्हान व्हड जावपी आवाज; • **(v)** वाऱ्यान हालप-धोलप; ल्हारेवप; झऱ्याचो झुळझुळ आवाज.

rise (v) उठप; उठून उबो रावप; □ जागो जावप; हांतरुणावयलो उठप; □ उदेवप; वयर येवप; □ (सभा, बसका) उठप; सोंपप; □ पुनर्जिवीत जावप; □ बंड करप; □ वयर सरप; चडप; □ (दर) वाडप; □ उपजप; भायर सरप; □ (दोळ्यांमुखार) येवप; □ प्रसंगार फावो ती धिटाय दाखोवप; □ वेवसायांत ऊंच वचप; वयल्या पांवड्यार वचप; • **(n)** चडाव; उबारी; □ उदेव; फूग; □ तरतर; उदरगत; बरी नामना; □ (दरांत) वाड; (पगारांत) वाड; □ उपज; उदरगत.

risk (n) धोको; भंय; कांच; दुबाव; संकश्टाची शक्यताय; जोखीम; जबाबदारी; • **(v)** संकश्टाक तोंड दिवप; संकश्टांत वा धोक्यांत घालप; दावाक लावप; • **risky (adj)** भंयाचो; संकश्टाचो; जोखमेचो; □ अश्लील; संकश्ट निर्माण करपी.

rite (n) संस्कार; देवकृत्य; देवकारें; • **funeral rites (n)** प्रेताक अग्नी दिवपा वेळावयले वा प्रेत मातयेक लावच्या वेळावयले धर्मीक विधी; □ रीत-रिवाज; • **ritual (n)** संस्काराचे विधी; कर्मकांड;

भोगावळ; □ संस्कार ग्रंथ.

rival (adj) एकेच गजालीपासत दुसऱ्या सांगाता सर्त करपी (खासा करून मोगांत, अधिकाराचे सुवातेर बी); • **(n)** प्रतिसर्ती; प्रतिस्पर्धी; □ बराबरी करपी; बराबरीचो; • **(v)** सर्तीक तोंड दिवप; सर्तीत जिखपाचो प्रयत्न करप; खांदाखांद जावप; • **rivalry (n)** सर्त; वडावड; खांदाखांद; तोंड दिवप.

rive (v) चिरप; कुडके करप; फळ्यो करप, काडप; फाली काडप; □ कातरो पडप; कातरप.

river (n) न्हंय; सरिता; • **river bank (n)** काठ; पाणटो; • **river-basin (n)** पात्र; न्हयची दोण; • **river-bed (n)** न्हयचो तळ; पात्र; • **river-craft (n)** पनेळ; • **river side (n)** न्हंयच्या कांठावयलो वाटार.

rivet (n) खिळ्याची एक तरा (दोनूय वटांनी ठोकपाचो); रिबीट.

rivulet (n) व्हाळ.

road (n) तयार केल्ली वाट; मार्ग; रस्तो; • **road metal (n)** रस्त्याक वापरतात ती खडी; • **road block (n)** रस्त्यावयलें आडमेळें.

roam (v) हेडप; कारणाविरयत भोंवप.

roar (n) गरज; घुरकणी; गाज; • **(v)** गरड घालप; गर्जप; गाजप.

roast (v) उज्यांत, मुमरात भाजप; खोर्नांत भाजप.

rob (v) (भय घालून, धंकान) लुटप; (घर फोडून) चोरप.

robe (n) कपडे; लुगट; वस्त्र.

robot (n) (घो) रोबोट; यंत्रीक मनीस.

rock (n) खडप; तळप; • **rocky (adj)** खडपी, तळपी (जमीन).

rocket (n) (घो) रॉकेट; अग्नीबाण.

rod (n) कांब; दांडो.

rodent (n) हुंदीर, सोंसो, चानी बी वर्गणांतलो प्राणी.

rogue (n) हलकट; फटींग; खांपो गुन्यावगार; □ (भुरगो) अवजाळी; • **roguery (n)** हलकटपण; फटींगपण; दगलबाजी; नाडगेपण.

role (n) (नाटकांतलो, सिनेमांतलो) कलाकाराचो अभिनय; भूमिका; पार्ट; □ लागणूक; कार्य.

roll (n) कवळ्ळेली वस्त; कवळो; कवळी; मोवळी; □ नोंद-पटी; नांवांची वळेरी; नामावळ; हजेरीची पटी; □ मार्गार जमीन एकतळ करपाचो रोलर; • **(v)** कवळप; कवळो; कवळी करप; □ (सिगार) वळप; (कारखान्यांनी विडयो) वळप; □ (वांगडाच सावांक आनी चोरांक) गुठलावप; □ मार्गार रोलर भोंवडावप; □ गडगडावन व्हरप; □ धोलप; □ ल्हारेवप; गर्जप; गाजप; • **roll-call, call the roll (v)** हाजिरी घेवप; • **roll of honour (n)** भोवमानेस्तांची वळेरी; • **roll number (n)** वळेरेंतलो क्रमांक; • **rolled gold (n)** भांगराचो वर्ख; • **roller (n)** (घो) रोलर; चेपून एकतळ करूक, चिड्डूक, रोस काडूंक उपकरावपाचो गडगडो; (सिलिंडर); □ आकांताचें ल्हार; □ **rolling pin (n)** लाटणें.

rollick (v) धुमशेणां कांडप; घोसोळ घालप; मौज-मजा करप.

roly-poly (adj) (भुरगो) गाडगुलांव.

Roman (adj) आदले रोम नगरीसंबंदीत; रोम शारांतलो; • **Roman alphabet (n)** रोमी लिपी; रोमी अक्षरमाळ; • **Roman numerals (n)** रोमी आंक : I II III IV V बी.

romance (n) येवरोपाची मदल्या युगांतली वीर गाथा; अद्भूत कथा; प्रणयकथा;

मोगा-कथा; □ (प्रत्यक्षांत चलता तो) मोग; मोगाचें वातावरण; • **Romance (n)** लॅटिनापासून उपजल्ल्यो भासो; • **romantic (adj)** अद्‌भूत; अळार हाडपी; आंगार कांटो फुलोवपी; □ कल्पनेंतलो; अवेव्हारीक; प्रत्यक्षापरस जातूंत कल्पनाविलास चड आसा असो.

romp (v) (भुरग्यांचें) खेळप, उडक्यो मारप; धांवप, पडप; कलकलाट करप; □ खुशालकायेन नाचप; • **(n)** आडांगी चलोभुरगो वा चलीभुरगें; □ आडांगीपण; धुडबुसां; हडबंगां; □ कांय न्हय करून मेळयल्लें जैत.

roof (n) घराचें पाश्ट; पाडस; पांखें; कोलू; □ ताळू; खोपो; □ तेमूक; • **(v)** घरार पाश्ट घालप; पाडस घालप; नळ्यांनी शिंवप; कोलवान धांपप; शाकारप; • **roofless (adj)** घरदार नाशिल्लो; उबंत; • **roofer (n)** घर शिंवपी; पाश्ट बांदपी; • **roofing tile (n)** नळो.

rook (n) कावळ्याची एक जात; डोमकावळो; □ बुद्धीबळांतलो हती; □ जुगारांत दुसऱ्याक नाडपी; • **rookery (n)** कावळ्यांचो अड्डो; कावळ्यांची वसती; □ झोपडपट्टी.

room (n) कूड; कोठी; □ जागो; सुवात; थळ; □ संद; फुरसत; उसरपत; • **room-mate (n)** वांगडा रावपी; • **roomy (adj)** आयस-पयस; लांब-रुंद; विसकळ.

roost (n) (शेवण्यांची बसपा-न्हिदपाची) ताळी; □ कोंबयांचो घूड; • **(v)** शेवण्यांचें न्हिदूंक बसप; राती वेळार ऊंच सुवातेर बसप; □ (मनशाचें) न्हिदप; न्हिदूंक वचप, विसव घेवप; • **rooster (n)** पोशिल्लो कोंबो.

root (n) पाळ; मूळ; □ खावचेलें मूळ (गाजर, मुळो बी); □ कारण; उगम; □ उतराचें मूळ; □ आधार; तत्व; • **(v)** मूळ धरप; रुजप; वाडप; खोल घांस घेवप; (दुकरान सोंडीन) भूंय उस्तप; □ कागदां उस्तप (सोदूंक); • **root out (v)** उस्तून काडप; मुळासावन हुमटप; नश्ट करप.

rope (n) राजू; दोर; आंजो; पांबी; वेंटो; • **(v)** राजवान, वेंट्यान बी बांदप; • **rope-dancer (n)** नाडेपेन्नकार; दोरयेर नाचपी.

rosarium (n) गुलाबांची बाग.

rosary (n) (कॅथलीक) जप; जपमाळ.

rose (n) गुलाबाचें झाड, फूल; गुलाब; □ गुलाबी रंग; • **rosery (n)** गुलाबांची बाग; • **rose-water (n)** गुलाबपाणी; • **rosewood (n)** फर्निचराचें लाकूड (वासावयल्यान नांव); • **rosette (n)** तुरो; रिबिनीचो गुलाब; फातरीर कोरांतिल्लो गुलाब; • **rosy (adj)** गुलाबी; तांबसार; □ उजळ; उमेदीचो.

roster (n) वावराच्या पाळयांविशींची नोंद-पटी; • **(v)** रोस्टराचेर नांव बरोवप.

rostrum (n) माची; मंच; वेदी; व्यासपीठ; □ चोंच; चोंचीसारकी वस्त, भाग.

rot (v) किडेल्ल्यान, कुशिल्ल्यान इबाडप; चड झरिल्ल्यान, कोसमेल्ल्यान वा इबाडिल्ल्यान गळप वा कोसळप; □ इपत्तींत पडप; □ (संस्था) पाड पडप; (बंद्याचें कादयेंत) कुसप; हाल जावप; • **(n)** इबाड; कुशिल्ली अवस्था; कोसमेणी; गळटी; □ पोकी बडबड; तालां; □ (झुजांत वा खेळांत) दानाधिस्पट; • **rotten (adj)** कुशिल्लो; इबाडिल्लो; उपेग नाशिल्लो; □ (नशीब) पाडें.

rota (n) पाळयेन वावरार येतल्यांची वळेरी; वावराची वळेरी; लागणुकांची जंत्री; □ (कॅथलीक) सर्वोच्च न्यायालय.

rotary (adj) घुंवतो; भोंवतो; फेऱ्यांचो; वेड्यांचो; • **rotate (v)** (कित्याचेय) भोंवतणी घुंवप; घुंवडावप; भोंवाडो, फेरो मारप; • **rotation (n)** फेरो; भोंवाडो; पाळी; • **rotor (n)** (घो) रोटर; यंत्राचो मुळावो घुंवपी भाग.

rote (n) घोकणी; अर्थ समजनासतना पाठांतर; किराभाशेन उलोवप.

rotund (adj) वाटकुळसार; वाटकुळो; गुळो कसो; गुलगुलीत; □ जड गुळो; उतरांनी भरिल्लें; पाल्लाळीक; □ फडाफड (उलोवप).

rouble, ruble (n) रशियाचें नाणें; (घो) रुबल.

rouge (adj) पोले तांबसार करूक लावचेलो पिठो, पो, मलम बी; कुंकमाचो, गुलालाचो रंग; • **(v)** पोल्यांक पिठो वा लेप लावप (तांबडे दिसूंक).

rough (adj) अबडदबड; अर्बट; खडबडीत; खरखरीत; सकयल-वयर; □ खवदळो; मस्तो; आडागी; □ कर्कश; घोगरो; असभ्य; अभद्र; □ लागीं लागीं; काम चलोवंक उपकरत असो; □ अन्नाडीपणाचो; • **(n)** जिवितांतलो कठीण काळ; रखरख; उतळताप; □ गुंड; मवाली; • **(v)** विसकटावप (केंस बी); तिडावप; तापत्रय काडप; • **roughly (adv)** अदमासान; अदाजान; चड-उण्या प्रमाणांत; □ कशाकसो; अपमानीत करून.

round (adj) वाटकुळो; गोल; पेल्ल कसो; □ पुराय; पुरतो; अंशांनी न्हय असो; • **(n)** नित्यक्रम; नेम; (डॉक्टरांचो हॉस्पिटलांत) नित्याचो फेरो; भोंवाडो; फावट; खेप; □ खेळाचो दाव; सत्र; • **(v)** वाटकुळो करप; फेरो घालप; घिट्टी घालप; गुठलावप; • **(adj & prep)** भोंवतणीं; सगल्या वाटांनी; अदमासान; अंदाजान; • **roundman (n)** घराघरान वचून म्हालाची विक्री, पुरवण करपी; • **round off (v)** बरे भाशेन सलवासप; आटापा हाडप; • **round up (v)** (गोरवांक बी) एकठावप; □ चोरांक बी धरप; □ विखंड आशिल्लें एक करप.

rouse (v) जागोवप; उठोवप; उचांबळावप; खुबळावप; चेतावप; साबुद्दीर हाडप; • **rousing (adj)** (येवकार) नेटाचो; उमेदीचो; घमघशीत; घणघणीत.

rout (n) दानाधिस्पट; □ मौजमजा करतल्याची टोळी; धुमशेण; • **(v)** मामकी दानाधिस्पट करप; धांवडावप; □ (दुकरान सोंडीन) जमीन उस्तप; □ मनीस वा वस्त सोदून काडप; घरांतलो ओडून भायर काडप.

route (n) (घो) रूट; वाहनांचो येवपा-वचपाचो रस्तो; दोन थळांमदलो वाहनानी वचपाचो नेमिल्लो मार्ग; दिशा.

routine (n) नित्यक्रम; परिपाठ; रिवाज; संवय; • **(adj)** चालंत.

rove (v) भोंवप; हेडप; (नदर) घुंवडावप; भिरभिरावप; □ चांचेपण करप; • **rover (n)** भोंवपी; हेडपी; पर्यटक; □ चांचो.

row (n) पंगत; रस्त; रांक; ओळ; हाळ; हार; □ होड्यांत बसून केल्ली भोंवडी; □ मोट्यान केल्लें झगडें; बोवाळ; गोवजी; • **(v)** व्हलोवप; व्हलोवन भोंवडेक व्हरप; □ मोट्यामोट्यान झगडप; • **row boat (n)** पनेळ; ताणून व्हरपाचें ल्हान होडें.

rowdy (adj) गुंड; मारामाऱ्यो, दंगे करपी; बोबाटो; झगडाळ; कायदो-नेम मानिनाशिल्लो; • **rowdyism (n)** गुंडाय; पुंडाय; मस्ती; मारामारी; बोबाट.

royal (adj) राजाचो, राजा वा राजघराण्या- संबंदीत; राजाक सोबसारको; राजेशाही थाटाचो; भव्य; ऊंच पांवड्याचो; • **royalty (n)** राजा वा राणयेची सत्ता, अधिकार; राजघराबो; • **royalties (n)** राजघराण्यांतलो लोक; □ लेखकाक बरपाच्या मालकी हकापोटीं उजवाडावप्याकडल्यान मेळपी पयशे; (घो) रॉयल्टी; धनी-पटी.

rub (v) घसटप; घांसप; चोळप; रगडप.

rubber (n) (घो) रबर; □ कागदार बरयल्लें पुसपाचो रबर; □ ब्रीज, क्रिकेट बी खेळांचे लागून तीन दाव; तिनांतल्या दोनांनी जैत; • **rubber stamp (n)** रबरी शिक्को; रबर-छाप.

rubbish (n) कचरो; कचप; कोयर; हळशीक; नाका जाल्लो जिनस; □ पोरण्या कोसळळेल्या घरांचो मातयेभरवण जाल्लो कचप; □ पोकी बडबड; न्हय तें उलोवप.

rubble (n) संकरो; कंकरी; खडी.

rubric (n) (तांबड्या अक्षरांनी बरयल्लो) माथाळो; • **rubricate (v)** तांबड्या तिंतान बरोवप, छापप.

ruby (n) (घो) रुबी; तांबडें रत्न; माणिक; • **(adj)** तांबडो गुंज.

rudder (n) (तारवाचें, विमानाचें) येरें, सुकाणें; वाट वा दिशा दाखोवपी तत्व; • **rudder post (n)** सुकाणें बांदून दवरपाचो खांबो; खुटो; • **rudderless (adj)** सुकाणें नाशिल्लो; जाका दिशा दाखोवपी ना असो.

ruddy (adj) (पोल्यांचो रंग) रसरशीत तांबसार; गुलाबी; तांबडो; (उज्याचो, मळबाचो) तांबडो रंग; • **(v)** तांबडो करप, जावप.

rude (adj) कर्कश; करडो; बर्बट; □ नेटकेपण नाशिल्लो; जंगली कसो; असभ्य; □ आदल्या काळचो; □ (उतरां) अपमान करपी; असभ्य.

rudiments (n) मूळतत्व; मुळावो सिद्धांत; सुर्वेचें गिन्यान; □ मूळ; आरंभ; सुर्वेची अवस्था; • **rudimentary (adj)** सुर्वेचें, आरंभाचें (गिन्यान); जाची वाड जावंक ना वा उणी जाल्या असो; आदल्या काळचो.

rue (v) (आपल्या आदल्या कर्तुबांवयर) खंतेवप; खेदप; मनस्ताप करप; पस्तावप; पच्छताप करप; विटप; • **(n)** एक वासाळ वनस्पत; ब्राह्मी; • **rue oil (n)** ब्राह्मी तेल; • **rueful (adj)** खंती; जाका पच्छताप जाला असो; काकूटवाणो.

ruffian (n) गुंड; मवाली; लफंगो; हिंसक वृत्तीचो मनीस; पयशे दिल्यार कितेंय करपी; सुपारी घेवपी (पयशे घेवन दुसऱ्यान सांगिल्लें वायट काम करपी).

ruffle (v) खवदळावप; विसकटावप; दुसऱ्याक अस्वस्थ करप; सस्तताय इबाडप; तिडप; तिडावप; □ (पक्षान) पांखटे फुलोवप, फडफडावप; □ इस्पिको, पुस्तकाचीं पानां फर्र करून फरफरावप.

rug (n) (घो) रग; कांबळ; बुरणूस; जमखण; गालिचो.

rugby (n) फुटबॉलाभाशेनूच पूण बॉल हातांनीय उडोवंक जाता असो खेळ (जातूंत बॉल तांतयाचे आकृतायेभाशेन आसता).

rugged (adj) (भूंय) खरखरीत; खडबडीत; धोंगां-पोंगांची; ऊंच-सकयल; □ (नुरा) मिरयो पडिल्ली; कुरूप; □ (ताळो) कर्कश; घोगरो; □ (वागणें) अशिश्ट; असभ्य; अर्बट.

ruin (n) पाड; गढ्ठाण; नश्ट; धूळदशा; खेव; मातयेभरवण अवस्था; सत्यानाश; दिवाळें; निसंतान; • **(v)** काबार करप, जावप; सत्यानाश करप, जावप; पाड पडप; • **ruins (n)** भग्न अवशेष.

rule (n) कायदो; नेम; □ राजवट; राज्य; सत्ता; □ नित्यनेम; सभावधर्म; □ न्यायाधिशान दिल्ली फर्मावणी; • **(v)** राज्य, शेक चलोवप; □ निवाडो करप; निर्णय दिवप; □ ओळ वा ओळी मारप; □ आटापांत दवरप; वयल्या पांवड्यार आमप; • **rule out (v)** (लक्षांतलें) काडून उडोवप; अशक्य करप, मानप; • **ruler (n)** सत्ताधीश; राज्यकर्तो; सरकार चलोवपी (व्यक्ती वा संस्था); सत्ता गाजोवपी; □ ओळी मारपाची पट्टी; पाचत; • **ruling (n)** (न्यायाधिशाचो, सभापतीचो) निर्णय; □ समातर वळी; • **(adj)** शासकाकडेन सत्ता आसा वा जो राज्यकारभार चलयता तो.

rum (n) (घो) रम; उसांकाड्यापासून काढिल्लो एक सोरो.

rumba (n) एक क्यूबन नाच, संगीत रचना.

rumble (n) गडगडाभशेन गाज; गडाड; कडकड, धगीकलाची आवाज; बैलागाडयेची खडखडाट, घुरघुर; कडकडप; • **(v)** गडाड, कलकलाट जावप; बैलागाडयेचो खडखड आवाज जायत वचप.

ruminant (n) रवंथ करपी जनावर; • **(adj)** ध्यानमग्न; विचारात, चिंतनात गुल्ल आशिल्लो; • **ruminate (v)** रवंथ करप; □ ध्यान, चिंतन करप.

rummage (v) उस्तून अस्ताव्यस्त करून सोदप; • **(n)** सोदतना हांगा-थंय शिपडलेल्यो वस्तू.

rummy (n) (घो) रमी; इस्पिकाचो एक खेळ.

rumour (n) फाकाय; हूल; अफवा; तोंडया चार-चौगामेन पाविल्ली खरी-फट खबर; आयकल्ली खबर; • **(v)** फाकाय, हूल उठप; अफवा पसरप.

rump (n) जनावराचो (पाय सोडून) फाटलो भाग; शेवण्याचो शेंपडेकडलो भाग; पेंगट; भेंड.

rumpus (n) बोबाट; कलकलाट; होळम; पळापळ; □ झगडें, मारामारी; बाचाबाची.

run (v) धांवप; पळप; (गाडी, बस) धांवप; (फिल्म) चलप; (नळ) व्हांवप; (यंत्र) चलप; (व्यापार-धंदो) चलप, चलोवप; (पत्राचेर नदर) मारप; • **(n)** (घो) रन; क्रिकेटांतली धांवडी; • **runner (n)** धावपी; रन काडपी; • **runner up (n)** उपवस्ताद; • **run out (v)** मोंपप; आनीक नासप; धांवबाद जावप; • **run over (v)** (वाहन) आंगावयल्यान वचप; • **run away (v)** पळून वचप; • **runway (n)** विमानतळावयलो धांवपट्टी; धांवपटो.

पळून गेल्लो.

rung (n) (निसणीचें) सपण; पांवडो; बसकेपोंदची पांय दवरपाची दांडी.

rupee (n) रुपय, रुपयो; • **rupees (n)** रुपया; रुपये.

rupture (v) मोडप; फुटप; कुडके जावप; शीर फुटप; □ इश्टागतीक वेर वचप, खाबटें पडप; • **(n)** मोड-फोड; इश्टागतींत इबाड; वेर; □ हर्निया (एक पिडा).

rural (adj) गांवगिरो; गांवासंबंदीत; खेड्याचो; शेतकामासंबंदीत.

ruse (n) तड्डक; नाडगेपण; घाडविद्या; गुडुल्लमांव; □ कंवटाळ; किचांट; □ नीब; हिकमत; मांडणी.

rush (v) ताकतीक करप; ताकतिकेन वचप, व्हरप, करप; धार नासप; धांवप; □ आंगार पडप; □ (दोळ्यांत दुकां) झर करून येवप.

rusk (adj) सादी, कुरकुरीत बिस्कूत.

russet (adj) पुडी रंगाचो कपडो.

rust (n) कळम; तांब; • **(v)** कळमेवप;

लोखणेवप; • **rust-proof (adj)** जाका कळम येना असो; कळमेआड उपाय घेतला असो.

rustic गांवगिरो; सादो; भोळो; □ गांवठी; अन्नाडी; असंस्कृत; □ अबडदबड; □ हात कारागिरीची (वस्त).

rusticate (v) विद्यार्थ्यांचें नांव पटावयल्यान कांय काळाखातीर काडून उडोवप; □ गांवजिवीत जियेवंक धाडप; गांवांत जियेवप.

rustle (v) (पुस्तकांतल्या पानांभशेन) फरफरप; (झाडांचीं पानां) सळसळप.

rut (n) (गाडयांक लागून) मोव मार्गार पडिल्ली खळी.

ruthless (adj) क्रूर; दयामाया नाशिल्लो; फातरा-काळजाचो.

rye (n) एक धान्य; जव; राय.

ryot (n) रयत; शेतकामती.

S s

S s रोमी अक्षरमाळेचें एकुणिसावें अक्षर.

sabbath (n) विसवाचो दीस; सुटयेचो, रजेचो दीस; धर्मकार्याचो दीस; ज्यू लोकांखातीर सप्तकांतलो शेनवार; क्रिस्तांवांमदें आयतार.

sable (n) आर्क्टीक वाटारांतलें एक ल्हान मोव केसाचें काळें जनावर; □ ह्या जनावराचें मोलादीक चाम; □ काळो रंग.

sabot (n) खडाव; लाकडाचो बूट

sabotage (n) विरोधकाचें यंत्र सामुग्रीचो वा गरजेच्या सायित्याचो केल्लो विध्वंस; घात-पात; मोड-फोड; • **(v)** विरोधकाची यंत्रसामुग्री वा गरजेचें सायित्य चोरयां मोडून फोडून उडोवप; ताच्या म्हत्वाच्या वावरांत नुलयत मोडटो घालप; • **saboteur (n)** घात-पात करपी व्यक्ती.

sabre (n) घोड्यावयल्या स्वारान वापरचेली बाग आशिल्ली तरसाद; खड्ग; • **(v)** तरसादीन धपको घालप, कातरप; घाय करप.

sac (n) प्राण्याच्या वा झाडाच्या आंगातलो पचकटो; पोती; चिरी; कोश.

saccharin (n) (घो) सॅकरीन; एक गोड पिठो; • **saccharine (adj)** साखर आशिल्लो; चड गोड.

sacerdotal (adj) पुरयताचो; पुरयतासंबंदीत; पाद्रीसंबंदीत; पाद्रीन, पुरयतान करचेलें (देवकृत्य बी).

sachet (n) वासाचें ल्हान पाकीट वा डबी (कपड्यांनी बी वासापासत दवरूंक).

sack (n) साक; गोण; पोतें; □ फौजेन वा उचांबळीत जम्यान केल्ली मोड-फोड; लूटमार; □ नोकरेवयल्यान रवानगी; • **(v)** साकांत भरप; □ गांव, शार लुटप; □ नोकरेंतल्यान काडप; • **sacking (n)** साकाचें लुगट; किंतान.

sacrament (n) (घो) साक्रामेंत; (क्रिस्तांवांत) धर्मीक संस्कार; □ मंत्र; □ सोपूत; प्रतिज्ञा; उतर.

sacred (adj) पवित्र; पावन; पुण्यवंत; □ देवापासत केल्लो; धर्मापासत केल्लो; • **sacred thread (n)** जानवें.

sacrifice (n) यज्ञ; याग; □ भेटवण; ओंपणी; □ अनिश्ट टळचें आनी कल्याण जावचें म्हणून केल्लो त्याग; जिवाक दिल्ली दंडणावणी; • **(v)** देवाक ओंपप (एकादरो प्राणी बळी दिवप); □ जिवाक दंडणावप.

sacrilege (n) पवित्र थळाची, देवळाची बी भश्टावणी; बाटोवणी.

sacrosanct (adj) चड पवित्र; परम पूज्य; भश्टूंक फावना अशी (सुवात).

sad (adj) खंती; दुखेस्त; चिंतेस्त; •

sadden (v) दुखी जावप, करप; खंतेवप; • **sadness (n)** खंत; उदासपण.

saddle (n) (सायकलीची, घोड्याचे फाटीवयली बी) बसका; सेल.

sadism (n) दुसऱ्याचें नश्ट पळोवन जाल्लें सूख; दुसऱ्याक पिडून, छळून भोगिल्लें सूख, घेतिल्लो भोग; पर-छळ.

safari (n) सावदांचे शिकारेपासत वा सावदां पळोवंक रानांत मारचेली भोंवडी.

safe (adj) जंय संकश्ट वा धोको ना असो; सुगूर; भरवंशाचो; पातयेवपाचो; खात्रीचो; • **(n)** तिजोरी; • **safeguard (n)** राखण दिवपी वस्त वा गजाल; □ पयलींच घेतिल्लो उपाय; आदीं पयलीं केल्ली तजवीज; • **safety (n)** सांबाळ; राखण; बरवें; सुगुराय; • **safety-belt (n)** आसन-पट्टो (विमानांतल्या प्रवाशांखातीर बी); • **safety lamp (n)** कोळशाच्या खणींनी बी वापरपाचो दिवो; • **safety match (n)** फस्क; उज्या-पेट; • **safety-pin (n)** आलफिनेत; बंद पीन; • **safety-valve (n)** प्रॅशर कूकरावयली वी ल्हान गुड्डी (हवेचो दाब उणो करपी).

saffron (n) केशराचो रोपो; केशर; • **(adj)** केसरी (रंग).

sag (v) (पाश्ट) भाराक लागून मदींच खाला देंवप; (पुलाक) बाग येवप; चेप पडप; पोंग येवप; लोंबप; □ पुरो जावप; □ मोल, दर देंवप.

saga (n) वीर-कथा; पराक्रमाची, शूरतायेची गाथा; वर्णिल्ली पराक्रमाची काणी; □ वंशकुळाची लांब कथा; कुळाचो इतिहास.

sagacious (adj) शाणो; बुंदवंत; जाका दिश्टावो जाला असो; बुददीन शिटूक; समजिकायेचो; • **sagacity (n)** बुदवंतकाय; समजिकाय.

sage (n) रुशी; मुनी; महात्मा; □ बुदवंत; सुज्ञ; पंडित; गिन्यानी; अणभव आशिल्ली व्यक्ती.

sagitta (n) बाण.

Sagittarius (n) धनु रास.

sago (n) सागू; साबुदाणो.

sail (n) तारवाचें शीड; तारवा-भोंवडी; तारूं; □ पवनचक्केचें वाऱ्या-पंख्याचें पातें; • **(v)** तारवा भोंवडेर वचूंक भायर सरप, वचप; तारूं सोडप; • **sailing (n)** दर्या-भोंवडी; दर्यासफर; • **sailor (n)** तारवटी; खलाशी; खारवी.

saint (n) संत; साधू; धर्मात्मो; इगर्जेन संतपद अर्पण केल्ली जावन गेल्ली व्यक्ती; • **(v)** (इगर्जेन) संत म्हणून जाहीर करप; संताचे नामावळींत आसपाव करप; • **sainthood (n)** संतपद; • **saintly (adj)** संताचे गूण आशिल्लो; संत कसो; पवित्र.

sake (n) आदाव; हीत; • **for the sake of** खातीर; (अमक्या-तमक्याच्या) हिताखातीर; • **for name's sake** नांवाखातीर; इज्जतीखातीर.

salable , saleable (adj) विकपासारको; जाका वा जो विकतो घेवं येता असो; • **sale (n)** विक्री; □ सवाय दरान विक्री; □ खप; पावणी; • **day's first sale (n)** बोणी; • **salesman (n)** दुकानांत म्हाल दिवंक नेमिल्लो मनीस; म्हालाच्यो ऑर्डरी घेवपी भोंवतो प्रतिनिधी; • **salesmanship (n)** म्हाल विकपाची कळाशी; • **sales tax (n)** विक्री कर.

salad (n) (घो) सालाद; हरव्या पानां-फळांची करम.

salary (n) पगार; पाग; मुशारो.

salient (adj) मुखेल; ठळक; नदरेंत

भरसारको; लक्षांत घेवपासारको.

saline (adj) खयण; खारट; खारो; मीठ कसो; • **salinity (n)** खारसाण; खयणुटाण; • **salinometer (n)** खारसाण मेजपाचें उपकरण.

saliva (n) लाळ; निष्ठ; थुकी.

sallow (adj) हळडुवो; धवसार; □ धवपाण पडिल्लो (पिडेस्त कसो).

salmagundi (n) मांस, तांतीं घालून केल्लें एक सालाद; □ सरभरस.

salmon (n) एक नुस्तें; • **salmon colour (n)** भगवो रंग.

salon (n) (अस्तेक) घरांतलें बसपा-उठपाचें साल वा कूड; दिवाणखानो; □ प्रदर्शनाचें साल.

saloon (n) (घो) सलून; बोटीच्या वा विमानाच्या प्रवाशांपासत बसपाची व्हडली कूड; □ मदिरालय; • **dancing saloon (n)** नृत्यालय; • **hairdressing saloon (n)** केशकर्तनालय; केशरचनालय.

salt (n) मीठ; खारसाण; □ रूच; • **(v)** मीठ घालप; मीठ मारप; मीठ फापडप; • **saltless (adj)** अयणी; अयणुटें; • **salted fish (n)** खारें; • **salty (adj)** खारो; खारट; खयणुटो; • **salt marsh (n)** खाजन; • **salt pan (n)** मिठागर; • **salt pit (n)** मिठागराची कुणगी; • **salt pan worker (n)** आगरी.

salubrious (adj) (वारें, हवा) पुश्टीचीं; भलायकेचीं; पथीक.

salutary (adj) (सल्लो) हिताचो; बऱ्याचो; बरो परिणाम घडोवपी.

salutation (n) अभिवादन; येवकाराचें उलोवप; नमस्कार; पाचारणें; प्रणाम; • **salute (n)** अभिवादन; नमस्कार; प्रणाम; सलामी; • **(v)** सलामी दिवप; अभिवादन, नमस्कार करप.

salvage (v) उज्यांतल्यान वांचोवप; (तारू वी) दर्यांत बुडटना तारप; म्हाल जळटना वा बुडटना वाटावप; • **(n)** उज्यांतल्यान वा उदकांतल्यान वाटायल्लो म्हाल; □ तुसकान-फारकाय.

salvation (n) मुक्ती; मोक्ष; निर्वाण; सर्गप्रवेश; □ वाटावणी; सुटका; निस्तर.

salve (n) मन शांत करपी, दुख्ख उणें करपी गजाल; □ दुर्खीचेर वखद; खतो; पाप; लेप; मलम; • **(v)** लेप, मलम लावप; खतो काडप; पाप घालप; □ मन शांत करप.

salver (n) रुप्या तबकडी.

salvo (n) सलामी म्हणून (वा झुजावेळारूय) वाऱ्यार एका सांगाता सोडिल्ले नाळींचे फार; □ खोजन्यांचो आवाज; □ विमानांतल्यान वांगडाच केल्लो बॉमांचो मारो; □ ताळयांचो वी कडकड; □ (आपणापामत) राखणे-उपाय; सांबाळ; □ इज्जत वाटावपाचो उपाय; □ नीब; टाळाटाळी.

same (adj) होच; तोच; तसोच; सारकोच; □ निरस; एकेच भाशेचो; बदल नाशिल्लो; □ दुसरो नव्य, तोच; □ सारको; समान; तसोच; तेच भाशेचो; • **(pron)** तोच; तींच; तेंच; • **(adv)** तेंच; तशेंच; (तरी) पूण; (तरी) कूय.

sample (n) पत; देख; नमुनो; उदाहरण; • **sampler (n)** नमुनो तपासपी; पारखी.

samurai (n) जपानी झुजाऱ्यांची आदल्या काळची जमात (इकराव्या ते एकुणिसाव्या शेंकड्याभेरेनची); हे जमातीचो वांगडी.

sanatorium (n) (घो) सॅनाटोरियम; फोपिसांच्या (पुलमांवांच्या) पिडेस्तांचें उपाय-घर; □ निवळटल्या पिडेस्तांची रावतिका; आरोग्य-धाम.

sanctify (v) (थळ) पवित्र, पावन करप; तीर्थ मानप; □ पातकांतल्यान मेकळो करप; □ धर्माची मान्यताय दिवप; □ (व्यक्ती) संत म्हणून जाहीर करप.

sanctimonious (adj) कवनी; पाखंडी; बुवाबाज; बावा जावन लोकांक नाडपी.

sanction (n) हयकार; परवानगी; अनुमती; मान्यताय; मंजुरी; □ कायद्याक धरून ख्यास्त; पुरस्कार; • **(v)** मान्य करप; पास करप; अधिकार दिवप; कायद्यांत पुरस्कार वा ख्यास्त दिल्ली आसप; • **sanctions (n)** आंतरराष्ट्रीय कायदे नेम मोडटल्या राष्ट्रांक लागू केल्ले निर्बंध; घेतिल्ले उपाय.

sanctuary (n) मंदिर, मशीद, इगर्ज बी पवित्र सुवात; गर्भकूड; गाभारो; मठ; तीर्थ-स्थळ; □ (गुन्यावगाराक) आलाशिऱ्याचें थळ; □ अभयारण्य.

sanctum (n) मंदिर; पवित्र थळ; • **sanctum sanctorum (n)** गर्भकूड; गाभारो.

sand (n) रेंव; • **(v)** रेंव-कागदान (पॉलीश पेपरान) घांसून टुळटुळीत करप; • **black sand (n)** आरय; • **sand-bar (n)** रेंवे-पटो; • **sand-castle (n)** रेंवे-कोट (भुरग्यांचें); • **sandstorm (n)** वाळवटावयलें मोड.

sandal (n) (घो) सँडल; चंदन; गंधाची कांडी; □ सँडल जोतें; • **sandalwood (n)** चंदनाचें लाकूड.

sandwich (n) (घो) सँडवीच; • **(v)** दोगांमदीं चिड्डप.

sane (adj) शाणो; समजिकायेचो; थंडपणान येवजुपी; थीरचित्त; • **sanity (n)** समजिकाय; मतीची थिराय; शाणपण.

sanguine (adj) उमेदी; उर्बेवंत; आत्मविस्वास आशिल्लो; □ (मुखामळान) तांबडोगुंज; □ रक्तरंगी; रक्तभरीत; • **(n)** तांबडो खडू वा लाप्स; □ ह्या खडवाचें चित्र.

sanitary (adj) भलायके संबंदीत; निवळसाणे संबंदीत; • **sanitation (n)** स्वच्छताय; निवळसाण; नितळसाण; भौशीक भलायकेचे उपाय.

Santa Claus (n) (घो) सांताक्लॉस; संत निकोलास (हो नातलाचे राती भुरग्यांक नुलयत भेट-वस्तू दवरून वता अशें मानतात).

sap (n) वनस्पतीचो दीख, रोस; □ मनीस कुडीक तांक दिवपी सत्व; □ रग; उमेद; उर्बा; □ अशीर आनी खोल चर; भुंयार; • **sapless (adj)** निसू; निसत्व; • **sappy (adj)** कवकवीत.

sapid (adj) सुवादीक; रुचीक; सुरबूस.

sapling (n) ल्हान झाड; रोपो; माडाचो कवाथो; □ तरणाटो; □ (साहित्यांत) निकतोच वयर सरपी.

saponaceous (adj) शाब्बाभाशेन; बुळबुळीत; • **saponify (v)** शाबू तयार करप; शाबू जावप.

sapphire (n) नीळ; नीळमणी; • निळो रंग; • **sapphire wedding (n)** लग्नाचो पंचेचाळिसावो वर्सदीस; नीलमजयंती.

sarcasm (n) थोमण्याचें, पियादांचें उलोवप; घालून-पाडून केल्लें उलोवप; लागपी, दुखोवपी उतरां; • **sarcastic (adj)** तीख; वर्मार बससारकें, लागसारकें (उलोवप).

sardine (n) ताल्लो (एक नुस्तें).

sardonic (adj) (हांसो) बकच्छायांचो; तोकासांवांचो; पियादांचो; बळयांचो.

sari (n) साडी; कापड.

sartorial (adj) शिवणेसंबंदीत; दर्ज्याक

लागपी (सामान); दादल्यांच्या वस्त्रांसंबंदीत.

sash (n) पामरी; कमरपटो; फेटो; □ कासलेट; दाराची वा जनेलाची हारशासयत फासकी.

Satan (n) सैतान; दैत्य; राकेस; म्हारू; □ मनशाक तायणेंत, मोहांत घालपी; • **Satanic (adj)** सैतानाचो; सैतानासंबंदीत; राक्षसी; दुश्ट.

satchel (n) शाळेंत वचपी भुरग्याचो बोटवो; दप्तर; आजयेचो बोटवो.

sate (v) इत्सा वा भूक भागोवप; जाय ताचेपरस चड दिवप; तृप्त करप; लागता ताचे परस चड खावप.

satellite (n) नक्षत्र वा गिऱ्याभोंवतणी घुंवपी उपगिरो; शास्त्रज्ञानी घडयल्लो अडेचो उपगिरो; □ अंकीत देस; वसणूक; □ व्हडल्या शाराक तेकून घडिल्ले ल्हान शार.

satiate (v) इत्सा वा भुकेपरस चड घेवप; तुडुंब, उपाट भरप; तृप्त करप.

satin (n) रसमी लुगट (हाची एक वट चकचकीत आनी सुळसुळीत आसता).

satire (n) नश्ट्या चाली-रितींचेर चाबकां मारपी नाटक वा कादंबरी; • **satirist (n)** आपल्या साहित्यांतल्यान वायट चाली-रितींचेर चाबका मारपी साहित्यीक.

satisfy (v) इत्सा वा गरज भागोवप; धादोशी करप; तृप्त करप; संतोस दिवप; • **satisfaction (n)** समाधान; संतोस; धादोसकाय; □ लुसकान-फारकाय; गरजेची पुर्तताय; • **satisfactory (adj)** समाधानाचो; संतोसाचो; मान्यतायेचो; सूखदिणो.

saturate (v) भरप; उपाट भरप; आकंठ भरप; □ भिजोवप; ओलो चिप्प करप; • **saturated (adj)** उपाट भरिल्लो; भरून ओतपी; जातूंत आनीक भरूंक जायना असो.

Saturday (n) शेनवार.

Saturn (n) शनी; • **saturnine (adj)** खंती; उदास.

sauce (n) (घो) सॉस; (खावपाच्या जिनसाक खेरीत रूच हाडूंक) आंबट तीख जिनस; □ रूच; मौजा; □ खरनखरे; • **saucepan (n)** मुठीचो तवो; कायल; • **saucy (adj)** पर्वा नाशिल्लो; उपद्रवी; आंगार पडपी; उर्मट.

saucer (n) पीर; बशी; ताटली.

sauna (n) हून वाफेचें न्हाण.

santer (v) सस्ततायेन पासयो मारप, सवकास चलप; • **(n)** सवकासायेची पासय.

sausage (n) च्योरीस.

savage (adj) रानसावद कसो; जंगली; रानवट; क्रूर; बर्बट; असंस्कृत; सुधारूंक नाशिल्लो.

savant (n) विद्वान, बुदवंत, गिन्यानी व्यक्ती; आचार्य.

save (v) संकश्टांतल्यान, नश्टांतल्यान वाटावप; वांचोवप; राखप; सांबाळप; □ पयशांचो इबाड, नश्टखर्च टाळप; जतनायेन दुडू मोडप; बचत करप; चार पयशे किरवंटेक आसप; • **(prep & conj)** बगर; खेरीज; • **saving (adj)** सांबाळपी; राखपी; काटकसरी; • **savings (n)** फुडारापासत वांचयल्ले पयशे; • **saviour (n)** संकश्टांतल्यान, नश्टांतल्यान दुसऱ्याक वाटावपी; • **Saviour (n)** (जेजू क्रिस्त) सोडवणदार.

savoire-faire (n) प्रसंगार योग्य तें करपाची कळाशी.

savour (n) वास; रूच; सुवाद; • **(v)** रुचीन खावप; • **savoury (adj)** सुरबूस; सुवादीक; आंबट-तीख; वासाक तशें रुचीक ओडलायणो; खोसदिणो.

saw (n) लाकूड (वा धातू) चिरपाचें एक आवत; खरवत; • (v) खरवतीन चिरप; कातरप; खरवत चलोवप; • **sawdust** (n) कुंडो; भुसो; कीस; • **sawmill** (n) भंगसाळ (मदेर बी चिरपाची); वखार; चिरपाचें यंत्र; • **sawyer** (n) चिरपी (मदेर); खरवती; खरवतकार.

Saxon (n) पांचव्या-सव्या शेंकड्यांत जर्मनींतल्यान बी इंग्लंडांत येवन स्थायीक जाल्ले जमातीची व्यक्ती; हे जातीची भास.

say (v) उच्चारप; उलोवप; सांगप; म्हणप; मत मांडप; बाजू मांडप; पतीखातीर दिवप (सादर करप); • (n) सांगणी; सांगणें; खबर; सांगपाचो अधिकार; सांगपाची संद; पकदस्त उतर; • **saying** (n) सांगणी; म्हणणी; म्हण; ओपार.

scab (n) (चवनावयली, घायावयली) खवळी; खपळी; चवन; माव; □ खाज; खातकुतली; □ संपांत वांटो घेनाशिल्लो कामगार; हरताळ-मोडो; फितूर कामगार; • (v) चवनार, घायार खवळी येवप; घाय भरून येवप; □ हरताळांत वांटो घेनासतना रावप; • **scabby** (adj) मावांनी, खवळ्यांनी भरिल्लो; □ हलकट (मनीस); • **scabies** (n) कातीचो रोग; खरोज; रंवथो.

scabbard (n) तरसादीची पोती; म्यान.

scaffold (n) माची; रंगमाची; □ इमारत बांदतना घडटात तें तिकटें; प्रांज; □ गुन्यावगाराक गोळार दिवपाची माची; • (v) तिकटें, माची बांदप.

scald (v) सळसळट्या उदकाचे वाफेन भाजप; जाळप; लासप; जाळून उडोवप; (दूद बी) जंतूविरयत करूंक तापोवप; आयदनां बी सळसळट्या उदकान धुवप; • (n) हुलपल्ल्याची दूख; जळजळ; उज्या-फोड बी.

• **scale** (n) नुस्त्याचें बी खवळ; जिवाण्याची बी कात; कांसवाचें कट्टें; □ सोल्ल; कल्ल; खपळी; दांतांवयलो बुरो; □ प्रमाण; पांवडो; दर्जो; माप-पटी; मान (पगाराचें बी); □ सारेगम सूर; • (v) वजन करप; वजन आसप; □ (निसणीन बी) वयर चडप; (ऊंचाय) चडून वचप; प्रमाणान तयार करप (नकसो); वाडोवप वा देंवोवप (पगार); • **scale pan** (n) तागडेचें दालें; • **scales** (n) तागडी; कांटो.

scallion (n) कांद्याची एक जात.

scallop (n) एके तरेचें कालूं; कोंगो; शंख; कोंगे उकडपाची कायल; • (v) शिंपयांभितर शिजोवप; उकडप; • **scallops** (n) अर्दचंद्राकृती झालर.

scalp (n) केंसांसयत माथ्याची कात; खड्डो; दोंगराचें झाडां नाशिल्लें वाटकुळें माथें; • (v) तकलेची कात सोलप; □ खर दूशण लावप; सोलून, उजरावन काडप; □ चड फायदो काडप.

scalpel (n) वैजाची ल्हान सुरी.

scam (n) गौडबंगाल; गुड्डुलसांव; अफरातफर; गैरवेव्हार; घुसपागोंदळ.

scamp (n) (एकेकदां तोखणायेन) बदमास; चलाख; दुश्ट; तोमसोळ; □ अवजाळी भुरगें; • (v) कशाकशें काम करप; लक्ष दिनासतना काम करप.

scamper (v) (हुंदराभाशेन भयान) पळप; पळून वचप; पपा काडप; पसार जावप; □ बेगीबेगीन वाचप; • (n) पळापळ; धांवाधांव; • बेगीबेगीन केल्ली यात्रा; झटपट वाचन.

scan (v) बारिकसाणेन नियाळप; तपासप; □ छंद मात्रा मेजप; लयेन वाचप; एका पोंतावयल्यान दुसऱ्या पोंतामेरेन लक्ष दिवप; पळोवप; चारूय वटांनी नदर मारप; झरझर वाचप; धांवती नदर मारप; • **scanner**

(n) पिडेस्तांक बारिकसाणेन तपासपी यंत्र.

scandal (n) लजेक घालपी करणी, घडणी; लफडें; भानगड; बदनामी; भानगडीक लागून जाल्लो बोवाळ; □ धवळे; फुतफुते; चाडयो; वाऱ्यार गजाली; • **scandal monger** (n) चाडयाळो; बोकडे मारपी; तालां मारपी; • **scandalize** (v) दुसऱ्याच्यो भावना दुखोवप; दुसऱ्याच्यो मास्रो गजाली वाड करून वाऱ्यार घालप; इज्जत काडप; दुसऱ्याक भावनीक धक्को दिवप; • **scandalous** (adj) लजेक घालपी; अपमान करपी; कलंक लावपी; लफड्याचो.

scant (adj) सामको उणो; नुपुरो; किरकोळ; जाय तातें परस उणो; • (adv) चुकून; नगापुरतो; सामको उण्या प्रमाणांत.

scape (n) फुलाचो वा फळाचो देट (जाका पानां नासतात).

scapegoat (n) (आदल्या करणाप्रमाण) ज्यू पुरयतानी लोकांचीं पातका धापून सोडिल्लो बोकड; दुसऱ्यान केल्ल्या गुन्यावाक जापमालदार धरिल्ली व्यक्ती; बळीचो बोकड; • (v) चूक एकल्यान करप, क्यास्त दुसऱ्याक दिवप.

scapula (n) खांदार्चे हाड.

scar (n) दाग; माव; खीण; बूट; □ (दुस्वासाचो, अपमानाचो) मनात पोळपी उगडास; मनार जाल्लो घाय; • (v) कातेर बूट दिवप; खीण पडप; माव उरप; घाय भरून येवप; खपळी येवप.

scarce (adj) (गरजेचे जिनस) मेळचेक कठीण; दुर्लभ; गरजेपरस उणे; पावनात अशे: • **scarcely** (adv) मातसो; हय-हयसो; चुकून; पुराय नहय असो; • **scarcity** (n) (गरजेच्या वस्तूंचो) उणाव; दुकळ; □ (मानाय) मेळनात अशी परिस्थिती.

scare (n) कांच; अबको; भयाची भावना; भिरांत; □ हावू; (शेतांतले) भेश्टावणें बावलें; • (v) भेश्टावप; कांच घालप; □ भियेवप; भयान ताळो बी सुकप; □ शेवण्यांक बी धांवडावप; • **scarecrow** (n) शेवण्यांक भेश्टावंक भुजवणें; हावू; शेतांत उबें केल्लें बावलें; □ अस्थिपंजर; • **scaremonger** (n) भयाच्यो खबरो पातळावपी मनीस; • **scary** (adj) भेश्टावपी; भय निर्माण करपी; कलकलावपी; □ भेजूड.

scarf (n) गळ्याभोंवतणी रेवडावपाचो लुगटाचो पटो; शेलो; रुमाल.

scarlet (n) शेंदुरी रंग; गाड तांबडो रंग; तांबडो कपडो.

scarp (n) उबें देगण; दोंगराची उबी कड; □ खंदक.

scathing (adj) खर; तीख; निबर; जबर; चाबरो; दुखरो; काळजाक तोपसारको.

scatter (v) शिपडप; शिपडावप; शिताडो घालप; □ पेट दिवन धांवडावप; दानाधिस्पट करप; □ नश्ट करप; विसकटावप; □ गुळयांचो शिताडो घालप; □ पळापळ काडप; □ शिपडून रावप; • (adj) जाचीं तकली फिरल्या असो, • (n) शिपडलेल्यो वस्तू; लहान शिवर; • **scatter-brain** (n) जाचें चित्त लागना असो; □ मूर्ख; □ आकूळ-पिकूळ; उथळ; चचल.

scatty (adj) (तकलेन) बोंडो.

scavenge (v) (कितेंय मेळटा जाल्यार पळोवंक) हळशीक उस्तप; मार्ग बी सात्रीन निवळ करप; □ खनीज निवळावप; □ यंत्राची काजळी काडप; • **scavenger** (n) झाडू-कामगार; भंगी.

scenario (n) नाटकाचो रुपकार; आयट; वेगळ्या वेगळ्या प्रवेशांचो, देखाव्यांचो आनी पात्रांचो क्रम; सिनेमाची कथा; पटकथा; दर्शनलेख.

scene (n) घडणी; प्रसंग घडटा ती सुवात; नाटक वा कादंबरेचें थळ; नाटकांतलो देखाव, प्रवेश; नाटक, सिनेमाचे फाटभुंयेचो पड्डो; □ सैमीक देखाव; □ स्थिती; दशा; वातावरण; परिस्थिती; □ आकसांव; फोन्न; प्रसंग; • **scenery (n)** (घो) सिनरी; सैमीक देखाव; निसर्गदृश्य; □ नाटकाचो सिनरी चितारिल्लो पड्डो.

scent (n) घमघम; परमळ; सुगंध; सुवास; □ अत्तर; चेर; □ वास (लागप); (वासाचो) माग; दुबाव; खुणा; • **(v)** वासान समजप; वळखप; दुबाव येवप; □ परमळावप; घमघमावप; □ वासाच्या मागान हुंगून सोदप; • **scented (adj)** घमघमीत; परमळीत; वासाळ; सुवासीक.

sceptic (n) नास्तिक; दुबावी; भावार्थ नाशिल्ली व्यक्ती.

sceptre (n) राजदंड; राजसत्ता.

schedule (n) वळेरी; अनुसूची; जंत्री; □ परिशिष्ट; □ वेळ-पत्र; थारायल्लो वेळ; • **(v)** वळेरी करप; थारायल्ल्या वेळार काम करपाचें आंखप • **scheduled caste (n)** अनुसूचित जात; • **scheduled tribe (n)** अनुसूचित जमात.

scheme (n) नकसो; नमुनो; □ तजवीज; उपाय; बेत; वेवस्था; □ धर्ती; □ येवजण; □ कूट; षड्यंत्र; • **(v)** येवजण आंखप; □ नकसो तयार करप; □ कूट रचप.

schism (n) फूट; मतभेदांक लागून कांय जाणांनी पंथ वा संप्रदाय सोडप; व्हडल्या जम्यांतल्यान फुटिल्लो पंगड.

schizophrenia (n) एक नेर्वां-पिडा (ही पिडा जाल्ल्याक नसतें नसतें दिसूंक लागता वा भास जातात; जायतेदां तो दुसरोच मनीस कसो वागता); मनविकृताय.

scholar (n) (तत्वज्ञान, इतिहास, साहित्याचो) पंडित; विद्वान; शिश्यवृत्ती मेळिल्लो विद्यार्थी; □ शिकपी; • **scholarship (n)** विद्वत्ता; □ शिश्यवृत्ती; विद्यावेतन.

school (n) (घो) स्कूल; शिक्षण दिवपी संस्था; शाळा; विद्यालय; (कांयकडेन) म्हाविद्यालय; विश्वविद्यालय; □ शाळेची इमारत, भवन; विद्यार्थीवर्ग; शाळेचो वेळ; शिकप; □ शिकपासारकी गजाल; □ विचारधारा; मत; संप्रदाय; पंथ; □ शैली; □ नुस्त्याचें भिरें; चोमो; • **(v)** शाळेंत वा शाळेंतले भाशेन शिकोवप; प्रशिक्षीत करप; □ चोम्यान जमप, भोंवप; • **school bag (n)** विद्यार्थ्यांचो बोटवो; दप्तर.

schooner (n) दोन वा अदीक धोलकाठयांचें तारूं.

science (n) विज्ञान; शास्त्र; विद्या; □ कळाशी; कारागिरी; तंत्र; • **science fiction (n)** विज्ञान-कथा; • **scientific (adj)** विज्ञानीक; शास्त्रासंबंदीत; शास्त्रान सांगला तसो; • **scientist (n)** शास्त्रज्ञ; वैज्ञानिक; विज्ञानी (खासा करून जीव, पदार्थ आनी खगोल शास्त्रज्ञ).

scintillate (v) झिणझिणप; (हिऱ्याभाशेन बी) चकचकप; किटी सोडप; □ मौजेच्यो गजाली करप वा आयकवप; • **scintillation (n)** चकचक.

scion (n) (नामनेच्या घराण्याचो) वंशज; संतान; □ कोंब; आंकूर; देळो; खांदी.

scissor (v) कातरीन कातरप, कापप; • **a pair of scissors (n)** कातर.

scold (v) (भुरग्याक बी) तापोवन काडप; मोठ्यान दटावप; रागान किळांचून उलोवप; किचकिचावप; • **(n)** झगडाळ बायल; कर्कशा.

scoop (n) एके तरेचें दावल; दवलो; □ कुदळ; खोरें; □ पयशांची अचकीत जोड;

□ एका पत्राचेर दिल्ली खास खबर (जी दुसऱ्या पत्रांक मेळूंक ना); • (v) दावलान काडप; खणप; खोऱ्यान कोळसो बी भरप; □ (खबर) हेरांपरस पयलीं मेळोवप.

scoot (v) वेगींवेगीं, ताकतिकेन वचप; धांवप; पळप.

scooter (n) (घो) स्कूटर.

scope (n) (वावराचें) मळ; विस्तार; शीम; सराद; मोख; आवाठ; संद; अवसर; फुरसत; मेकळीक.

scorch (v) वयल्यान मातसो जाळप; काळो करप; हुलपावप; जळप; हुलपप; वयणप; रंग वा रूच इबाडसर करपप; रखरखान रंग विटप; • (n) जाळिल्ल्याची, हुलपल्ल्याची माव, निशाणी, चटको; • **scorching** (adj) भाजपी (ताप); चरचरावपी; (टिका) मर्मभेदी, बोचरी.

score (n) (कातीक) गाज; वळ; □ चीर; कातरण, □ खेळासर्तीत जोडिल्ले अंक, गुण, धावड्यो बी; खेळातले जोडीची नोंद; □ वीस; विसाचो पुजो; पगड; □ मेजतना केल्ली कुरू; करवण; □ येण्या-देण्याचो हिशोब; □ कारण; □ शिमची वळ; • (v) सर्तीत गुण जोडप; सर्तीतल्या गुणांची बी नोंद दवरप; □ जैत जोडप; □ रीण फारीक करप; □ खटी मोडप; • **score-board** (n) अंक-फळो; खेळातले गुण बी दाखोवपी फळो.

scorn (n) तिरस्कार; घृणा; तुच्छतायेची भावना; • (v) तिरस्कार, घृणा करप; उवेखप; • **scornful** (adj) घृणेचो; तुच्छतायेचो.

Scorpio (n) वृश्चिक रास; • **scorpion** (n) विंचू.

scotch (v) (येवजण) पाड घालप; निर्फळ करप; □ चिड्डप; दामून दवरप.

scot-free (adj) ख्यास्त, दंड लागू जायनासतना सुटिल्लो; • (adv) ख्यास्तीविरयत; दंड लागू जायनासतना.

Scotland Yard (n) लंडनच्या पुलिसांचें थाणें; लंडनचे गुप्तहेर खातें.

scoundrel (n) बदमास; पाडो; दुश्ट मनीस.

scour (v) धुवन आनी घांसून तळ निवळ-नितळ करप; शाबू बी लावन वस्त्रां धुवप; चिखल काडप; उदकाच्या झोतान नळ, कान, तूंब निवळ करप; पोट साफ करप; घांसून कळम काडप; □ गस्त घालप; वाटारभर खांची कोनशाक सोदप; फाटल्यान लागप; • (n) निवळावणी; नितळाय; निवळ केल्ली सुवात; सफाय; उदका धारेची निवळ करपाची तांक.

scourge (n) ख्यास्त दिवपाचें चाबूक; देवान धाडिल्ली ख्यास्त (झूज, महामारी बी); अपदा; संकश्ट; अपसरण; □ पाड घालपी वा सतावपी मनीस; काळ; • (v) चाबकान मारप; खर ख्यास्त लावप.

Scout (n) लॉर्ड बेडन पॉवेल हांणी 1908 वर्सा स्थापन केल्ल्या स्कावट असोसियेशनाची सभासद व्यक्ती; बालवीर; वीरबाला; • **scout** (n) गुप्तहेर; दुस्मानाच्या प्रदेशांत वावुरपी खबर-काडो; □ गुप्त म्हायती पुजावपाचें काम; □ तेळणी करपी बोट.

scowl (v) रागान पळोवप; भोंवयो चडोवप; कपलाक मिरयो घालप; • (n) रागिश्ट, तीख नदर.

scrabble (v) भुरके काडप; झुडप; झोपय मारून ओडप; □ बिरबिटावप; □ सोदप; सासपून सोदप; • (n) (घो) स्क्रॅबल; उतरां घडोवपाचो एक खेळ.

scrag (g) (n) हाडकुटो मनीस वा जनावर; हाडाचो सांपळो; • (v) गची मुड्डप; • **scraggy** (adj) किडकिडीत; हाडकुटो; सांपळो कसो.

scramble (v) (हात-पांय उपकरावन) वयर चडप; सरपटप; आंगार पडप; झुडून वचप; जिनस चडावत मेळचो म्हणून झोपय मारून ओडप; लोकाची ओडाओड लागची म्हणून पयशे शिवरावप; बेगीबेगीन वा अन्नाडीपणान कसलेंय काम तडीक व्हरप (इबाडप); □ तांतयां फोडून कायलींत घालून तळसप; • **(n)** ओडाओड.

scrap (n) कुडके; तिसत्यो; वादच्यो; कावल; वापरून बाद जाल्लो म्हाल (धातूचे पत्रे बी); • **(v)** नाका म्हणून कुशीक उडोवप, भायर मारप.

scrape (v) आवतान टुळटुळीत करप; चक्क करप; खरवडप; (जमीन बी) उस्तून निवळ करप; □ (खाड) करप; (केंस) मारप (मारून घेवप); बशी वा ताटली चाटून निवळ करप; रगडप; खराखरा आवाज काडप; □ काटकसर करून कांय पयशे किरवंटीक लावप; पयसो-पयसो करून पुंजावप; □ मातसो घसटप; घसटून वचप; □ केंसान वाटावप; वांचप; □ कसोबसो पास जावप; • **(n)** पेनाची घसटणी; पेन खरखरावन बरयल्लीं कांय उतरां; □ संकट; दगदग; • **scraper (n)** खरवडावपाचें आवत; किसणी; कांतनें.

scratch (v) खरवडावप; खरपप; खाजोवप; किचमप; कोरांतप; गांज ओडप; • **(n)** गांज; बारीक घाय; घसटणी; • **(adj)** खिचडी, सरभरस कसो; • **scratchy (adj)** (चित्र) कशाकशें काडिल्लें; (पेन) बरयतना खरखरपी; फोल पिंजपी.

scrawl (v) घसटप; घांसून बरोवप; गिचमीट बरोवप; बिरबिटावप; • **(n)** गिचमीड बरप.

scrawny (adj) किडकिडीत; कट्टर, काडी पैलवान; हाडकुटो.

scream (v) किळांचप; किळांच मारप; हुयेली मारप; होळम घालप.

screech (v) किळांचप; किळांची मारप; हुयेली मारप; • **(n)** किळांच; आइडी; हुयेल; बोब.

screed (n) लांबयल्लें वाजवाजयणें भाशण वा पत्र; पिरंगणेची कथा; □ पट्टी; कांब (प्लास्टर सपाट करपाक).

screen (n) पड्डो; आडस; □ सिनेमाचो पड्डो; □ जनेलाक बी लावपाची जाळी.

screw (n) मळसुदीचो, वेड्याचो खिळो; • **(v)** घुंवडावन वा वळून घट करप; • **screwdriver (n)** (घो) स्क्रू-ड्रायव्हर; दिशपीश; • **screwy (adj)** विक्षिप्त; आथवो; कोल्ली; चक्रम.

scribble (v) बिरबिटावप; (कळपाक कठीण अशें) ताकतिकेन बरोवप वा चितारप; अर्थ नाशिल्ल्यो रेगट्यो मारप.

scribe (n) लेखनीक; लिपीक; घाल्लें बरोवपी; हातांनी बरोवन प्रत तयार करपी; तालीक काडपी; • **scribe-awl (n)** लाकडाचेर, विटांचेर ओळी मारपाचें तोपण.

scrim (n) सदळ वीण आशिल्लें लुगट; फोराचें लुगट.

scrimmage (n) लटाफट; मारामारी; कुलकुलाट.

scrimp (v) हातचें राखून मोडप; काटकसर करप; जोखून दिवप; हिमटेपण करप; □ वस्त्र शिंवतना कपडो उणो वापरप; चामटेपण करप.

scrip (n) कच्ची अस्थाई पावती; पावती-पत्र; शॅर सर्टिफिकेट; □ बरयल्लो कागदा-कुडको.

script (n) लिपी; हस्ताक्षर; हातबरप; □ हाती अक्षराभाशेन छापणावळीचो टायप; □ म्हत्वाचीं कागद-पत्रां (दुकुमेंत); परिक्षेची उत्तर-पत्रिका; • **script-writer (n)** नाट्यरुपान कथा बरोवन सादर करपी.

scripture (n) बायबल; □ खंयच्याय धर्मांची पवित्र बरपावळ; फातरपटो.

scrofula (n) कंठमाळ; एक गळ्याची पिडा.

scroll (n) फोलींची कवळी; लोळी; □ वेटाळ्यांची, वालींची, फुलांची नक्षी; • (v) गुठलावप; लोळी करप; □ वेटाळ्यांची, वालींची नक्षी काडप.

scrub (v) निवळ करपाखातीर ब्रशान वा निबरान घांसप; घांसून धुवप; चोळप; □ हात घांसून धुवप; • (n) झील; झिलकूट; झोंप; □ गिड्डो मनीस; किरकोळ मनीस; • **scrubby** (adj) म्हुटेल्लो; गिड्डो; खरखरीत.

scruff (n) मानेचो वयलो भाग (जाका धरून माजराक वा उबारतात).

scruffy (adj) दिमूक हळशिकावणो; बुरसो; म्हेळो; कळिंद्री.

scruple (n) बऱ्या-वायटाचो विचार; अनमनणी; पातकाच्या भयान जावपी मनाचे आटचिट; • **scrupulous** (adj) येवजून वागपी; पातक-भिरतेचो; चत्रायेन पावल घालपी; शितीद बाळगुपी.

scrutinize (v) बारीकसाणेन नियाळप; तपासप; धिजप; पारखप; • **scrutiny** (n) बारीकसाणचो नियाळ; तपासणी; पळोवणी; समिक्षण; परिक्षा; पारखुपी नदर.

scud (v) (कुपाचे) मळबात नेटान उडप वा वेगान वचप; मोडापयलीं वचप.

scuffle (n) आगार पडून झोंबून बी केल्ली लटाफट.

scull (n) लहान व्हल्लो; • (v) व्हलोवप.

scullery (n) आयदनां बी घांसपाची कूड; मात्रें.

sculptor (n) मुर्तीकार; शिल्पकार; शिल्पी; कांतोवन वस्तू करपी; • **sculpture** (n) धातू, लाकूड बी कातोवन वा सांच्यांतल्यान घडयल्ल्यो सोबीत वस्तू; शिल्प; □ शिल्पकला; मुर्तीकला; □ कंगरखीस.

scum (n) सळसळट्या उदकांत उफेवपी म्हेळ; तवंग; तेलटो; फेण; □ कोयर, घाण, म्हेळ; □ समाजांतलो सकयलो वर्ग.

scurf (n) माथ्याचें खरड; माथ्यांतलो कुंडो.

scurrilous (adj) (मनीस) तोंडान उणाक; पोजडो; झगडाळ; • (भास) पोजडी; अश्लील; अव्राडी.

scurry (v) तुरतुरीत वचप; ताकतिकेन काम करप; • (n) धांवाधांव; ताकतीक; बांवाळ; धांदल; नेटान धांविल्ल्याचो आवाज; सरसर आवाज.

scut (n) मोटवी, लांडी शेंपडी.

scuttle (n) पाटलो; खोटलो; बालदी; □ बोटीचे कडेक आशिल्लो धापण्याचो बुराक; घराच्या पाश्टाक दवरलेलो बुराक; □ पळापळ; धांवाधाव; • (v) बोट बुडोवची आसल्यार बोटीक बुराक करप; आशिल्ल्या बुराकाचें धांपणें उगडप; (बुराक करून) बोट बुडोवप; □संकश्टांतल्यान वा अडचणींन्यान सुटका मेळोवंक पळून वचप; पपा काडप; तुरतुरीत धांवप; □ आस्त सोडप.

scythe (n) विळो; • (v) विळ्यान कातरप; लुवप.

sea (n) दर्या; दर्यो; समुद्र; समदीर; सागर; • **sea anchor** (n) तारवाचां गती मंदावंक उदकांत सोडिल्लो बालदी; कापडी नांगर; • **seaboard** (n) दर्यदिंगेचो वाटार; • **sea-borne** (adj) तारवांतल्यान व्हेल्लो, हाडिल्लो; दर्यातलो; • **sea-breeze** (n) दर्यातल्यान भुंयेकडेन येवपी झणझण वारें; • **sea-coast** (n) दर्या-देग; दर्या-कांठ; • **seafarer** (n) तारवटी;

खलाशी; बोटलेर; दर्या-भोंवडेकार; • **seafood (n)** खाऱ्या उदकांतलें नुसतें, कुल्ल्यो बी; • **sea-gull (n)** दर्याविळेवयलो एक पक्षी; • **sea-level (n)** दर्याची उबारी; ऊंचलो थर; • **seaman (n)** तारवटी; खलाशी; • **seaplane (n)** उदकांतल्यान उडपी आनी उदकांत देंवपी विमान; • **seaport (n)** दर्यांतलें बंदर; अशा बंदराचें शार; • **sea shell (n)** शिपी; घूल; करपां; • **sea-shore (n)** दयदिग; दर्याकांठ; दर्याविळ; भरती आनी सुकती हांचेमदलो पटो; • **sea sick (adj)** तारवाच्या बोटीच्या हालपा-धोलपाक लागून जाका दर्या लागता असो; • **seaweed (n)** दर्याभितल्ली, देगेवयली वनस्पत, झिलां, झोपां; • **seaworthy (adj)** दर्याभोंवडेक फावो वा उपकरना असो.

seal (n) (घो) सील; पत्राचेर लाखेन मारिल्ली म्होर; छाप; शिक्को; मुद्रा; • **(v)** सील करप; शिक्को मारप; □ हवाबंद करप; घट्ट धांपप; (वाट बी) बंद करप; □ मान्यताय दिवप; • **sealant (n)** सील करूंक वापरपाचो जिनस; • **sealing wax (n)** लाख.

seam (n) लुगट शिंवले उपरांत जाता ती ओळ; सांदो; □ गांज; • **seamy (adj)** शिवण दिसता ती (वस्त वा वट); • **seamy side (n)** शिंविल्ल्या लुगटाची उरफाटी वट.

sear (v) सुकोवप; भाजप; □ दाग दिवप; □ (काळीज) घट करप.

search (v) मनीस वा वस्त सोदप; □ (चोरयां म्हाल व्हरतात जाल्यार) तपासप; बारिकसाणेन नियाळप; चवकशी करप; • **searching (adj)** (नदर) थाव घेवपी; • **searchlight (n)** उजवाडाचो झोत सोडपी दिवो; सोद-दिवो; तेळणेचो झोता-दिवो; • **search warrant (n)** घर वा एकादरी सुवात तपासूंक अधिकृत आज्ञा; अशें आज्ञा-पत्र.

season (n) रुतू; मोसम; (पिकेचे, जात्रांचे बी) दीस; □ **(v)** खाणा-जिनस मीठ-मिरसांग मारून करमेवप; सुवादीक करप; □ मदेर वता-पावसांत रांपोवंक दवरप; □ (खेळगड्यांक बी) तयार करप; • **seasonal (adj)** त्या त्या काळापुरतो, दिसांपुरतो; मोसमापुरतो; • **season ticket (n)** पयलीं पयशे फारीक करून काडिल्लो बसीचो, रेल्वेचो बी कांय काळाखातीरचो पास.

seat (n) बसका; आसन; जागो; (विधानसभेचें, लोकसभेचें) वांगडीपण; • **seat belt (n)** विमानांत बी बसतकूच पोटाभोंवतणी बांदपाचो पटो.

secede (v) देशांतल्यान फुटून वेगळें जावप; संस्थेकडलो संबंद तोडप; • **secession (n)** वेगळी चूल मांडप; देसांतल्यान फुटून वेगळें जावप; वेगळेचार.

seclude (v) हेरांपासून पयस दवरप; एकलोच रावप; एकांतवासांत रावप; • **secluded (adj)** एकसुरी (सुवात); एकांताचो; • **seclusion (n)** एकांत; एकांतवास; निवांत सुवात.

second (n) सेकंड; मिनुटाचो साठावो वांटो; खीण; • **(adj)** पयल्या उपरांतचो; दुसरो; एक सोडून; आनीक एक; • **(v)** तेंको, फाटबळ दिवप; □ बदली म्हणून धाडप; • **seconds (n)** दुसऱ्या पांवड्याचो म्हाल; पयल्यापरस मातसो उणाक म्हाल; • **secondary (adj)** (शिक्षण) मुळाव्या उपरांतचें; माध्यमिक; □ पालवी; हातासकयल्लो (नोकर); उण्या म्हत्वाचो; उणे गरजेचो; मुखेल न्हय असो; • **second best (adj)** बऱ्यांत बऱ्या उपरांतचो; बेस

बऱ्या फाटोफाटचो; • **second childhood** (n) बाळबुद्धी; धनरपण; जाणटेपणातलें सैरभैरपण; • **second class** (n) दुसरो दर्जो, पांवडो; □ खंयच्याय वाहनांतलो, थियेटरांतलो पयल्या उपरांतचो वर्ग; • (adj) दुसऱ्या दर्जाचो; पांवड्यान उणो (म्हाल); • **second cousin** (n) तिसोल-भावण; आवय वा बापायल्या बापोल-आते-मामे भावांलें वा भयणींलें भुरगें; • **seconder** (n) प्रस्तावाक बी तेंको, फाटबळ दिवपी; • **second hand** (n) घडयाळींतलो सेकंड दाखोवपी काटो, हात; • (adj) आदीं वापरलेलो; अस्सल नव्हय अशो; नवो नव्हय अशो; आडगत; • **secondly** (adv) दुसरें म्हळ्यार; आनीक मागतलो जाल्यार; • **second rate** (adj) पांवड्यान उणो.

secrecy (n) गुट; गुपीत; गोम; गोमनाशें; रहस्य; □ (कितेय) गुमानीत दवरपाची कळाशी, एकमुखपण; • **secret** (adj) दुसऱ्यांपासून लिपयल्लो (गजाल); • (n) लिपोवन वा हेराक खबर दिनामतना दवरपाची, दवरलेली बी गजाल; अंतरातलो खबर; मागपाची नव्हय अशी खबर; □ मर्मेद; सिक्रेट; □ कृत; • **secret agent** (n) जाग-माग लायनामतना खबरो पुजावपी; गुप्तहेर; गुमानीत खबरकाडो; हुंगो; • **secrete** (v) लिपोवप; लिपोवन दवरप; गुप्त दवरप; लिपप; लिपून रावप; • **secretive** (adj) गजाल लिपोवन दवरपी; घट्टबद्दाचो; भितल्ले गाठीचो; घुमो; मरुव; • **secret service** (n) गुप्त खबरो काडपी खातें; • **secret talks** (n) गुपीत वाटाघाटी; गुपीत गजाली; रजबल्ल्यो.

secretariat (n) सचिवालय; (कांयकडेन) मंत्रालय; प्रशासकीय कामकाजाची मदेवर्ती कचेरी; सचिवांचो पंगड; □ एकादो आंतरराष्ट्रीय संस्थेची कचेरी; • **secretary** (n) (घो) सेक्रेटरी; कारभारी; कार्यदर्शी; चिटणीस; सचीव; (कांय देसांनी) मंत्री.

secretion (n) स्रवण; निस्सार; प्राण्याचे कुडीन रगतापासत बाय तें घेवन नाका तो सोडिल्लो पदार्थ (लाळ, मूत वी).

sect (n) संप्रदाय; पंथ; मुखेल धर्मापासून कडसरून वेगळो पंगड करून जियेवपी लोक; जमात; • **sectarian** (adj) संप्रदायवादी; जमातवादी; □ न्हान-न्हान पंगडांनी जियेवपी; □ संकुचीत; असहिष्णु.

section (n) मुखेल धडापासून वेगळायल्लो वा तोडिल्लो भाग; घटक; खंड; विभाग; □ पुस्तक वा वरपाचो वाटो; प्रकरण; □ (फळाची) शीर; □ कचेरीतलें खातें; विभाग; • (v) वांटे करप; शिरो करप; • **sectional** (adj) विभागाचो; विभागीय; विभागासंबंदीत.

sector (n) (समाजाचो, अर्थकारणाचो) विभाग; फौजी उपायांपासत देसाचे केल्ले वाटार.

secular (adj) (घो) सॅक्युलर; संसारीक; प्रपंचीक; निधर्मी; धर्मातीत; धर्माचेर आधारिल्लो नव्हय असो; इगर्जेच्या शेकातळा ना असो; □ सासणाक तिगपी; एकादे पर्वांत वा शेंकडयांत येवये असो; • **secularism** (n) सॅक्युलरीझम; नागरी जिवितांत धर्माक सुवात ना अशें मानपी तत्वज्ञान.

secure (adj) (संकश्ट, अपदा, इबाडापासून) सुगर; हुसक्या-मेकळो; चिंता नाशिल्लो; □ घट; मजबूत; तुटचो ना वा पडचो ना असो; खात्रीचो; पातयेवपासारको; भरवंशाचो; • (v) सुगर दवरप; संकश्टापासून वाटावप; संपादन करप; योग्य तें फियांस, हवालो, तारण दिवप

वा घेवप; राखून दवरप; (कैद्याक) बंद करप; बांदप; हालूंक-धोलूंक ना दिवप; प्रयत्न करून मेळोवप; खेरपण करप; • **security (n)** सुगूरपण; राखण; सुरक्षा; खात्री; □ तारण; जामीन; □ रोखे (शॅर्स; सर्टिफिकेटां बी); **जामीन दिवपी**; • **securities (n)** सरकारी हुंड्यो; रीण घेतिल्ल्याचीं उतर-पत्रां; • **Security Council (n)** युनोची सुरक्षा परिशद.

sedan, sedan chair (n) आदल्या काळचें भोयांनी उबारून व्हरपाचें आसन; माचूल; पालखी.

sedate (adj) शांत; गंभीर; शिश्ट; पकदस्त; • **(v)** (गुंगेच्या वखदांनी) थंडावप; शांत करप; • **sedation (n)** उचांबळाय धंडावंक केल्ले उपाय; उचांबळाय शांत जाल्ली अवस्था; • **sedative (n)** मनावयलो ताण उणो करपी वखद; उचांबळाय धंडावपी, मन शांत करपी वखद; थंडावण.

sedentary (adj) (वावर) बसून करपासारको; बशिल्लो; बशिल्ले अवस्थेंतलो; □ बसून रावपी; (जनावरां) फतकल मारपी; जड; चड भोंवनात तसलीं; (शेवणीं) दुसरेकडेन वचनात तसलीं; □ सावदाचेर उडी घालूंक बसून राविल्लो.

sediment (n) कसय; मूर; गाळ; विरगळनासतना तळाक जमता तो पिठो.

sedition (n) बंडाखातीर मारिल्लो उलो; सत्तेआड उठाव; बंड; विद्रोह.

seduce (v) फुसलावप; भुलोवप; अनितीचे वाटेक लावप; वायट नादाक लावप; ओडणेंत, मोहांत घालप; अळार हाडप; • **seduction (n)** ओड; मोह; आशा; हांयस; जादू; मोहिनी; • **seductive (adj)** फुसलायणो; भुलयणो; नादाक लावपी; वायट मार्गान व्हरपी.

sedulous (adj) कश्टी; उद्देगी; जागरूक; हुशार; चित्त लावन काम करपी.

see (v) पळोवप; □ समजप; दिसप; मनाक जाणप; □ खेरपण करप; □ जतनाय काडप; लक्षांत घेवप; अणभवप; येवजप; परिस्थितींतल्यान वचप; भेटप; भेटूंक वचप; सांगात दिवप; • **(n)** बिशपसायबाचो वाटार, धर्मपीठ; बिशपसायबाचें आसन, पद; • **the Holy See (n)** पापसायबाचें पद, दरबार; अधिकाराखालचो वाटार; • **see off (v)** निरोप दिवंक हजर रावप; गेल्लो जाय जावप; बळान धांवडावप; • **see through (v)** गरजेक, संकश्टाक पावप; वावर सोंपसर सांगात दिवप; अंतस्थ परिस्थिती जाणप; • **see you! (int)** मेळचें! परतून मेळुंया! येतां....

seed (n) बीं; रोव; पार; □ मूळ; □ संतत; संतान; • **(v)** बीं रोवप; रोव घालप; □ फळांतली बी काडप; • **seedbed (n)** (भाताचो) रोव काडपाची कुणगी; बेडे कोंबेवपाचें अळप; मिरसांगेचो तरवो; • **seedling (n)** निकतोच वयर सरिल्लो रोपो; भाताचें थाम; नाट; केळीचो मोको; माड-माडयेचो कावथो; आंब्या-पणसाची आळ; • **seed pearl (n)** ल्हान मोतीं; • **seedy (adj)** (फळ) बियांनी कुचकुचीत; (कपडे) पोरणे-बोंदरे; □ अजागळ; कळिंद्री; बुरसो.

seek (v) (शेणिल्ली वस्त) सोदप; सोदूंक वचप; सोदून मेळोवंक वावरप; यत्न करप; चवकशी करप; विनंती करप; मेळोवप; सांपडावप; • **seeker (n)** प्राप्तीखातीर सोद घेवपी; इत्सूक.

seem (v) मनाक वा दोळ्यांक दिसप; जाणवप; थावप; • **seeming (adj)** वयल्यावयलो; उखलापो; देखाव्याचो; बाह्यात्कारी.

seep (v) पातेवप; पगळप; व्हांवप; झिरपत

वचप; भायर सरप.

seer (n) द्रश्टो; दिश्टाव्याचो मनीस; अद्भूत तांक आशिल्ली व्यक्ती; फुडाराक कितें घडूं येता हाचो जाणकार.

seesaw (n) (घो) सीमां; एक भुग्यांचो खेळ; • (v) वयर सकयल झेल घेवप.

seethe (v) (द्रव) सळसळावप; खतखतावप; सळसळप; खतखतप; बोमाडे येवप; □ (ओगान, गगान) खतखतप; □ पातळ जिनसांत फुगोवप; चिप्प करप.

segment (n) वेगळावं येत असो कुडको; भाग; वांटो; वर्तुळ-खंड; • (v) कुडक्यांनी वांटप; कुडके जावप.

segregate (v) वेगळावप; कडसरावप; मुखेल पंगडांतल्यान वेगळो दवरप; वेगळेचार करप; उणाक वागणूक दिवप; अल्पसंख्यांकांक वेगळे दवरप; • **segregation** (n) वेगळेचार; समाजातल्या एका वांट्याक उणाक मानून वेगळ्या वाटारांत दवरप.

seine (n) गपण; नुसतें धरचें जाळ.

seism (n) भुयकांप; धरणीकांप; • **seismic** (adj) धरणीकांपासबंदीत; भुंयकांपाक लागून जाल्लो; • **seismograph** (n) भुंयकांपाची नोंद घेवपी साधन; • **seismology** (n) भुंयकांपासबंदीचो अभ्यास; भूकंपविज्ञान.

seize (v) (हातानी बी) धरप; कब्जो घेवप; सुवादीन घेवप; ताब्यात घेवप; जप्त करप; झोंपून घेवप; लक्षांत घेवप; (संदीचो) लाव घेवप; (गजाल) खबर आसप; सुचोवप; □ (दोरखंडा) बांदप; • **seizure** (n) जप्ती; झोंपून काडचेलें, ताब्यात घेवचेलें कर्तुब; □ मोडणें (मारून येवप); फीट.

seldom (adv) क्वचून (पावप); केन्नाय.

select (v) दोगांमदली वा चडांतलो वेंचून काडप; • (adj) चड बरो; वेंचीक; • **selected** (adj) वेंचून काडिल्लो; वेंचीक; खाशेल्या गुणांचो; □ (प्रवेशाचे बी नदरेन) मर्यादीत; • **selection** (n) निवड; वेंचून काडिल्ली गजाल; वेंचणूक; • **selective** (adj) वेंचणुकेचेर आधारिल्लो; जतनायेन वेंचिल्लो; निवड करपाची कुशळताय आशिल्लो.

self (n) आपूण; हांव; स्वता; खासा; आपूण; आत्मो; स्वार्थ; • (adj) (रंग) एकसारको; (फूल) एकरंगी; • (pron) आपणाक; एकल्यानूच; एकलोच; • **selfish** (adj) सुवार्थी; आपल्या वाद्याचो; सगलो आपलोच फायदो पळोवपी; • **selfless** (adj) निसुवार्थी.

self (prefix) आत्म; स्व; स्वता.

self-abnegation (n) आत्मत्याग; स्वता जावन केल्लो पदाचो बी त्याग.

self-abuse (v) आपणें आपणाक खेपप.

self-accusation (n) स्वताक दूशण दिवप.

self-addressed (adj) जाचेर आपलें नांव बरयलां असो (लाखाटो).

self-aggrandizement (n) हांवपण; आपलीच वाडवीक वाढोवप.

self-appointed (adj) आपणेंच आपणाक नेमिल्लो; आपणाकडेन सत्ता घेतिल्लो.

self-assurance (n) आत्मविस्वास.

self-centred (adj) आत्मकेंद्रीत; जाका आपलेबगर दुसरो दिसना, येवजना असो.

self-complacent (adj) आत्मसंतुश्ट.

self-confessed (adj) आपूण जावन कबूल जाल्लो.

self-confidence (n) आत्मविस्वास.

self-conscious (adj) भिडेस्त; आत्मभानी; दुसरे आपणाविशींच उलयतात, येवजितात बी अशें मानपी.

self-contained (adj) घुमो; भितल्ले गांठीचो; आपलेभितर गुल्ल; आपल्याचेरूच पातयेवपी; जाका उणें कांय ना असो; □ (फ्लॅट) जातूंत सगळी मांडणी आसा असो.

self-contradictory (adj) अंतर्विरोधी.

self-control (n) आत्मसंयम; आपलें आपणाचेर नियंत्रण.

self-deception (n) आत्मवंचना; आपणें आपणाक फटोवप.

self-defence (n) आत्मरक्षा; स्व-संरक्षण.

self-denial (n) आत्म-क्लेश; आपणें आपल्या जिवाक दिल्ली दंडणावणी.

self-determination (n) स्वयंनिर्णय; आत्मनिर्णय.

self-educated (adj) स्वयंशिक्षीत; आपल्या प्रयत्नांनी शिकून वयर सरिल्लो.

self-effacement (n) आपणें आपणाक नगण्य लेखप; आपलें अस्तित्व पुसप.

self-employed (adj) जोडीखातीर आपलो आपूण वेवसाय चलोवपी.

self-esteem (n) आपणें आपली केल्ली तोखणाय; आप-व्हडवीक; हांवपण.

self-evident (adj) आपापूण कळसारकें.

self-explanatory (adj) आपापूण समजाविशी दिवपी.

self-government (n) स्वराज्य; स्वशासन; थळाव्या लोकाच्या हातांत सत्ता.

self-help (n) आपल्या कामाक आपणेंच केल्लो वावर.

self-interest (n) सुवार्थ; आत्महीत; स्वताचो फायदो.

self-knowledge (n) आत्मज्ञान; आपगिन्यान.

self-made (adj) आपल्या कर्तुबान फुडें सरिल्लो.

self-portrait (n) आपणें काडिल्लें आपलें चित्र; साहित्यांतल्यान उबें केल्लें आपलें चित्र.

self-realization (n) आत्मसाक्षात्कार; आपूण कोण हाची जाण.

self-regard (n) आत्मगौरव; आप-व्हडवीक; आपलेविशीं आदराची भावना.

self-reliance (n) आत्मनिर्भरता; आपलो आपणाचेर भरवंसो.

self-respect (n) आत्मसन्मान; स्वाभिमान.

self-restraint (n) आत्मनिग्रह; आत्मसंयम; आवरणें.

self-righteous (adj) दंभी; आपणाक (गुणांनी) कोण लागना अशें मानपी; प्रामाणिक तो आपुणूच अशें मानपी.

self-sacrifice (n) आत्मत्याग; दुसऱ्यापासत आपलें बलिदान; आपल्या जिवाक दुसऱ्यापासत दिल्ली दंडणावणी.

self-satisfied (adj) आत्मसंतुश्ट; आपखोशयेंत बुडिल्लो.

self-service (n) आप-सेवा; एकादऱ्या दुकानांत गिरायकान आपणें आपणाक जाय तें काडप.

self-styled (adj) आपूण आपणाक पदव्यो, बिरुदां लावपी.

self-sufficient (adj) स्वयंपूर्ण; स्वावलंबी; दुसऱ्याच्या आधाराची गरज नाशिल्लो.

sell (v) विकप; व्यापार करप; दुडवांनी वा हेर कितेंय दिवन-घेवन वेव्हार करप; बाजारांत मागणें आसप; □ विस्वासघात करप; दुडवांनी आपणाक विकप; आपली इज्जत विकप; • **sell off (v)** उरिल्लो म्हाल सवाय दरान फुकप; आगळे-उणे

दोरेन सगलें विकून उडोवप; • **sell out (n)** जिच्यो सगल्यो तिकेटी खपल्यात अशी कार्यावळ; • **(v)** आशिनाशिल्लें विकप; □ विस्वासघात करप; फितुरी करप; फित्तूर जावप.

sellotape (n) (घो) टेप; चिकटपट्टी; सेलोटेप नांवाची चिकटपट्टी; • **(v)** टेपीन चिकटावप.

selvage (n) लुगटाचीं कुसां भायर सरूंक फावना म्हणून केल्ली मेटण.

semantic (adj) अर्थासंबंदीत; • **semantics (n)** उतरांच्या अर्थासंबंदान शास्त्र; अर्थविचार.

semaphore (n) रेलगाडयेंक सिग्नल दिवपाचें उपकरण; सिग्नलयत्र; • **(v)** सिग्नल दाखोवप.

semblance (n) सारकाय; जुळटें-मेळटें रूप; सया; □ भायलें रूप; देखावो; □ आभास; झळक.

semen (n) वीर्य; शुक्र; धात.

semester (n) स महयन्याचें वांमत्र; अभ्यासाच्या वर्सांच्या दोन वाटयांतलो एक; अर्दवर्सुकें.

semi (prefix) अर्दो; काय वाटयानी.

semi-annual (adj) दर अर्द्या वर्सा पडपी; अर्द वर्स तगपी.

semicircle (n) अर्दवर्तूळ; अर्दवर्तुळाच्या आकाराची, आकृतायेची वस्त.

semicolon (n) मातसो विराम (;).

semiconductor (n) (घो) सेमीकंडक्टर; अर्दचालक; कांय परिस्थितींत वीज व्हांवन व्हरचेली तांक आशिल्ली एक वस्त.

semi-conscious (adj) अर्दसुददीर आशिल्लो; बेमुद जावक ना असो.

semifinal (adj) निमाण्या आदलो; उपांत्य.

seminar (n) (घो) सेमिनार; परिसंवाद; चर्चासत्र; संशोधन-सत्र; • **seminarist (n)** गुरुकुलांत शिकपी; सेमिनारींतलो विद्यार्थी; • **seminary (n)** पाद्रींचें (पुरयतांचें) प्रशिक्षण केंद्र; मठ.

semination (n) वोंपणी; बीं किन्नत घालप; रुजवणा घालप; □ (विचार) प्रचार.

semitic (n) ज्यू, अरबी, सिरीयन ही जातींतली व्यक्ती; • **(adj)** ज्यूसंबंदीत; • **semitic languages (n)** हिब्रू, अरेबीक, सिरीयन ही भासो.

semi precious (adj) अस्सल खड्यापरस उण्या कसाचो.

semi-skilled (adj) अर्द-कुशळ; वावरायचें थोडेंगे तंत्र जाणा असो; (कामगार) जाका तंत्रशिक्षणाची गरज आसा असो.

semolina (n) कणो; रवो; सुजी.

senate (n) (घो) सिनेट; (कांय देशांनी) कायदेमंडळाची वरिश्ठ सभा; वरिश्ठ संसद; □ विद्यापिठाचें कारभारी मंडळ; • **senator (n)** सिनेटचो वांगडी.

send (v) धाडप; खंयना करप; वचूंक लावप; कळोवप; येवंक लावप; मागोवप; • **send off (n)** भायर गांवांक वतल्यापासत निरोपाची कार्यावळ; • **sender (n)** धाडपी.

senile (adj) उतार पिरायेंक लागून धनर, सतरवितर, सैरभैर जाल्लो; जाचेर उतार पिरायेचो परिणाम जाला असो; • **senility n)** म्हातारचळ; बाळबुदद; वय; म्हातारपणांतली सैरभैर अवस्था.

senior (adj) व्हडलो; वरिश्ठ; वडील; ज्येश्ठ; म्हालगडो; पिरायेन जाणटो; • **seniority (n)** ज्येश्ठताय; वडीलकी; □ नोकरेची दिर्गाय.

sensation (n) इंद्रीयबोध; भावना; संवेदन; □ खवदळ; खवदळाचें कारण;

भौशीक उचांबळाय; • **sensational (adj)** भौशीक मळार खवदळ निर्मुपी; (खबर) सनसनाटी.

sense (n) इंद्रीय; ज्ञानेंद्रीय; पांच इंद्रियांतलें एक; □ अक्कल; गिन्यान; जाण; अर्थ; समजिकाय; सयराण; • **(v)** साबुद्दीर आसप; सयराणार आसप; कर्तुबाची जाण आसप; □ अदमास, सुलूस लागप; अणभव येवप; • **senses (n)** साबुद्द; सयराण; भान; इंद्रियांची जाणपाची तांक; • **senseless (adj)** अर्थ नाशिल्लो; पिशेपणाचो; □ साबुद्दीर नाशिल्लो; चुरको नाशिल्लो; नदर नाशिल्लो; • **sensible (adj)** समजिकायेचो; जाका चुरको आसा असो; चत्रायेचो; नदर आशिल्लो; शाणो; • **sensibility (n)** संवेदना-शक्त; चुर्र जावपाचो गूण; मोवळाय; भावनेची नाजकाय; जाण; • **sensitive (adj)** मनाक लावन घेवपी; रोखडोच मन दुखोवन घेवपी; जाचेर रोखडोच परिणाम जाता असो.

sensual (adj) कुडीसंबंदीत; इंद्रियांसंबंदीत; भोगांत रमपी; नादयो; इंद्रियसुखाचें चॅट लागलां असो; • **sensuous (adj)** इंद्रियांक, कुडीक खोस दिवपी.

sentence (n) वाक्य; □ ख्यास्त; दंड; ख्यास्तीचें फर्मान; पानवळ; • **(v)** ख्यास्त लावप; • **sententious (adj)** थोडेभितर सांगपी; संक्षिप्त; वाक्यान सांगून सोंपोवपी; □ जाणवायो सांगपी; निरस उपदेश करपी; आव हाडपी.

sentiment (n) भावना; मनोभाव; विचार; मत; येवजप; चिंतप; • **sentimental (adj)** भावूक; भावनाशीळ; □ मनान नाजूक; □ गळसणून गेल्लो.

sentinel (n) राखणदार; पारो करपी.

sentry (n) पाऱ्याचो, राखणेचो पोलीस.

separate (v) वेगळो करप, जावप, रावप; वेगळावप; वांटे करप; कडसरप; कडसरावप; कुशीक सारप; कुशीक काडप; (नातें) तोडप; तोडूंक लावप; • **(adj)** दुसरो; वेगळो; कडसरिल्लो; स्वतंत्र; कुशीक रावपी; • **separable (adj)** वेगळावं येता, वाटूं येता असो; • **separation (n)** वेगळेचार; वेगळावो; वेगळीक; वियोग; पयस रावणें; □ इश्टागतीचो शेवट; □ वेगळेचाराची खुणा.

September (n) सप्टेंबर; क्रिस्ती वर्सांचो णववो म्हयनो.

septennial (adj) सात वर्सां तगपी; दर सात वर्सांनी घडपी; सात वर्सां संबंदीत.

septet (n) सात वाजोवप्यांचो वा गावप्यांचो पंगड; ह्या पंगडापासत रचिल्लें संगीत; सातांचो पुंजो.

septic (adj) पूं तयार करपी जंतूंचो; असल्या जंतूंसंबंदीत; पुलेल्लो; पुलेणां भरिल्लो; • **septic tank (n)** (घो) सॅप्टीक टँक; निवळावणे-टांकी; भुंयेपोंदा बांदिल्ली टांकी (जांतलें घाण उदक जीव निवळायतात).

septuagenarian (n) सत्तर तीं एकुणअंयशीं वर्सां पिरायेची व्यक्ती.

septum (n) नाकांतलो पड्डो; नाकांतल्या पड्ड्याभाशेन वणत; पटल.

septuple (adj) सात पटींनी चड; • **(v)** सातांनी गुणप.

sepulchre (n) तळप कोरांतून केल्लें वा चिऱ्या-विटांचें थडें; कबर; समाधी.

sepulture (n) निकिपणी; फोंडाक लावप; समाधीकरण.

sequel (n) उपरांत जावपी घडणूक; परिणाम; (कथेचो बी) उरिल्लो वांटो; उत्तर भाग; □ तात्पर्य; फळ.

sequence (n) अनुक्रम; परंपरा; एका फाटल्यान एक अशी मांडावळ; • **sequence of events (n)** घडणुकां-क्रम; • **sequential (adj)** परिणाम म्हणून घडपी.

sequester (v) वेगळावप; वेगळो-वेगळो करप; एकमुळो दवरप; दुसऱ्यांक मेळपापासून आडावप; एकसुरे सुवातेर रावंक वचप; एकांतवासांत रावप; □ रिणकाराची आसपत रीण फारीक जायसर जप्त करप.

serenade (n) रातीवेळार मोगिणीच्या जनेला सामकार रावन वाजयत गावपाचें प्रेमगीत.

serene (adj) शांत; नितळ; निवळ; □ कुपां नाशिल्लें नितळ (मळब); • **serenity (n)** थंड शांत वातावरण; शांत सभाव.

serf (n) वेटीचो वावराडो; आदल्या काळांतलो भूंय कसपी बंदो.

series (n) क्रमान केल्ली मांडणी; तींच पात्रां (मनशां) आशिल्ल्यो पूण वेगळ्यो-वेगळ्यो कथा वा कार्यावळी; □ एकेच कंपनीन उजवाडा हाडिल्ली ग्रंथ-माळ; □ नाणीं वा तिकेटांचे सट; • **serial (n)** (घो) सिरियल; (टीवी, रेडियोचेर बी) नेमान खिस्तींनी सादर केल्ली कार्यावळ (कथा, नाटक बी); नेमान उजवाडा येवपी प्रकाशन; • **serialize (v)** क्रमान, खिस्तींनी उजवाडावप, सादर करप.

serious (adj) गंभीर; खोलायेन येवजुपी; भारदस्त; पकदस्त; म्हत्वाच्या विशयासबदीत; □ (पिडेस्ताची परिस्थिती) गंभीर; हुसक्यात घालपी.

sermon (n) (घो) सेर्माव; प्रवचन; धर्मोपदेश (बायबलाचेर आधारलेलो); शिकवण; □ बऱ्याची सांगणी; □ (कोण कानामनार घेना अशी) निरर्थक बडबड; चरपटपुराण; पोको उपदेस; • **Sermon of the Mount (n)** जेजूचें पर्वत-प्रवचन.

serpent (n) जिवाणें; सोरोप; □ घातमारो मनीस; • **serpentine (adj)** मोडणांमोडणांची (वाट); मोडणी (वाट वा न्हंय बी).

serrate (adj) (पानां) दांतऱ्यांच्या कडाची; खरवतीभाशेन कातऱ्यांची.

serum (n) लस.

servant (n) सेवक; सेवेकार; वावराडो; घरकामाक दवरलेलो मनीस.

serve (v) सेवा करप; सेवेक आसप; चाकरी, नोकरी करप; नोकरेर आसप; □ उपकरप; लागणूक करप; □ सैन्यांत आसप; (नोकरींत, कारखान्यात शिकपांत, बंदखण भोगपांत) काळ घालोवप; जेवतल्यांपासत खाण-जेवण मांडप, वाडप, हॉटेलांत वेटर म्हणून वावरप; सरकारी नोटीस पावती करप; • **serve (n)** जेवण-खाणाच्या समारंभात उपस्थितांक खावपा-पियेवपाचें जिनस दिवपी; वाडपाचें बी काम करपी; □ वाडपाचें आयदन.

service (n) नोकरी; चाकरी; सेवा; आधार; सरकारी सेवा; (टेलिफोन बी) भौशीक सेवा; □ वाहनाची तपासणी, दुरुस्ती.

serviette (n) (घो) टेबल नॅपकीन; कागदाचो नॅपकीन.

servile (adj) बंदो कसो; गुलामाभाशेन; दास; 'हय सायबा' करपी; लैंगलैंग करपी; पाळवो; फापारमुटको.

servitude (n) बंदेपण; गुलामी; दासपण; दावण.

sesame (n) तीळ.

session (n) सत्र; बसकेचो वेळ; बसका; सभा; अधिवेशन.

set (v) (मेकळो) सोडप; (उजो) लावप; (मेज) मांडप; (हाड) बसोवप; (घडयाळ)

लावप; (दीस) थारावप; (दीस) अस्तमप; (आदर्श) मुखार दवरप; (उर्बा) दिवप; (मुदयेंत थिकां) बसोवप; (तळाक) थारप; • (n) माचयेची मांडावळ; एकासारक्या वस्तूंचो पुंजो; विंगड विंगड वस्तींचो सट.

set about (v) आरंभ, सुरू करप.

set against (v) आड, विरुद्ध उबो रावप; तुळा करप.

set aside (v) कुशीक दवरप; कडसरावप; काडून उडोवप.

setback (v) जागो आनी वेळाचे बाबतींत आनीक फाटीं काडप; उदरगत आडावप वा फाटीं ओडप.

set-back (n) उदरगतीचें आडावण; परतवण; आडमेळें; (व्यापार-धंद्यांत) मार; तत्पुरतो धक्को; (झुजांत) हार.

set down (v) बरोवन नोंद करप; (बसीन) थांबून प्रवाशांक देंवक दिवप.

set in (v) सुरू जावन चलत उरप; (भरती) सुरू जावप.

set off (v) (भोंवडेक) भायर सरप; □ मूळ रकमेंतल्यान उणो करप.

set on (v) फुडें वचप; अचकीत घुरी घालप.

set out (v) आरंभ करप; भायर सरप; कितेंय करूंक हात घालप; जाहीर करप.

set to (v) पोटतिडकेन अभ्यासाक लागप; पेटून वावराक लागप.

set up (v) (खांबो बी) उबो करप; मांडावळ उबी करप; व्यापार-धंदो सुरू करप.

settee (n) तेंकून बसपाचो हाताचो सोफा.

setter (n) हुंगून सावद होलमुपी पेटो, सुणो.

settle (v) थाऱ्यार घालप; थीर जावप, बसप; विसव घेवंक रावप; (बिराडान) रावप; थंड, शांत जावप; (उदकांत गाळ) पोंदा थारप; (धुल्ल) पोंदा बसप; तळाक बसप; रीण, बील फारीक करप; मान्य जावप, करप; न्यायालयांत वचनासतना आपसांत काबासांव करप; • **settlement** (n) अर्थीक, व्यापारी कबलात; काबासांव; फारकाय; □ ठांयबसणी; वसणूक; • **settler** (n) वसणूक करपी; राबितो करपी; वसतेकार; नवे वसतेंत घर करून रावपी; • **settle down** (v) सुशेगाद बसप; थंड बसप; कामांत लक्ष घालप; लक्ष लावन काम करप; संवसारांत थीर जावप; • **settle for** (v) तडजोडीक तयार जावप.

sevenfold (adj) सात पटींनी चड इतलो.

seven seas (n) सात समुद्र.

seventh heaven (n) सर्गसुखाची सुवात; सर्गसूख.

sever (v) तोडप; वेगळावप; मेकळो करप; वांटे करप; कुशीक काडप.

several (adj) एक दोनांपरस चड (पूण खूब चड न्हय); साबार; जायते.

severe (adj) कडक; खर; गंभीर; निबर; निश्ठूर; जिवाक त्रास दिवपी (हवा बी).

sew (v) सूय-सुतान शिंवप; कपडे शिंवप; • **sewing** (n) शिवण; • **sewing machine** (n) शिवणयंत्र; शिवणेमिशीन; शिवणेमाकन.

sewer (n) तूंब; कान; • **sewage** (n) तुंबांतल्यान सोडटात ती हळशीक, घाण उदक बी; • **sewerage** (n) जमनीपोंदा तुंबाची, कानाची मांडावळ.

sex (n) लिंग; बायल वा दादलो ही स्थिती; □ कामवासना; • **sex appeal** (n) दादलो आनी बायल हांच्यांत वसपी एकामेकांक ओड लावपाचो गूण.

sexagenarian (n) साठ तीं एकुणसत्तर वर्सां पिरायेची व्यक्ती.

sextet (n) स गावप्यांचो, वाजोवप्यांचो

पंगड; ह्या पंगडाचें संगीत.

sexton (n) हाजेंतलो पेदो.

sextuple (adj) स पटींनी चड; स वांटे आशिल्लो; • (n) स पटींनी चड आंकडो; • (v) स पटीनी गुणप.

shabby (adj) विटको; म्हेळो; बुरसो; जिरजिरीत; बोंदरो; कळिंद्री; □ चामटो; उणाक.

shack (n) खोंप; खोंपटी; कोलवाचें, फळकुट्यांचें बी खोंपूट.

shackle (n) बेडी; हातकडी; खोडो; सांखळ; बंधन; • (v) बेडी, खोडो घालप; आडावप; आडमेळें हाडप.

shade (n) सावट; सावळी; सया; □ चित्रांतलो काळो वांटो; काळो रंग; □ आड्स; एकमुखी थंड मुवात; □ दिव्यावेलें तोपरें; • (v) सावट घालप; सावट पडप; धांपप; • **shades** (n) काळोख; • **shady** (adj) सावळी, धाकाय दिवपी; □ (वेव्हार) काळव्हो; अप्रामाणिक.

shadow (n) कित्याचीय सावळी; सावट; पडबिंब; □ काळोख; आड्स; □ आलाशिरो; राखण; □ खत; • (v) धांपणें घालप; आड्साक दवरप; राखण दिवप; • **shadow cabinet** (n) समांतर मंत्रीमडळ; • **shadow play** (n) सावळे-चित्रांचो खेळ (नाटक).

shaft (n) (घो) शाफ्ट; □ भालो; तीर; □ दैट; दांडागे; काड; कुदळ, खोचाचो बी दांडो; □ बताची, उजवाडाची तिरपी; वैलांगाडयेचो वारीस; धोरू; मूठ.

shaggy (adj) केंसाळ; विसकटलेल्ल्या केंसांचो.

shake (v) हालप; लकप; धोलप; कडकडप; थरथरप; हालोवप, लकोवप बी; भेस्टावप; वावडप; मूठ उबारप; • (n) (घो) शेक; मिल्क शेक बी; □ कांप; धसको; दचको; खवदळ; हालोवणी; • **shake hands** (v) (भेटे वेळार, निरोपा वेळार) दुसऱ्याचो हात हातांत घेवन हालोवप; • **shakedown** (n) (हांतर कशें) पातळायल्लें तण; • **shake down** (v) (झाडावयलें) फळ पाडप; □ झड घालप; तण पातळावप; • **shake off** (v) फापडून उडोवप; सुटका मेळोवप; मेकळो जावप; • **shake up** (v) (वखद) हालोवप; □ सतावप; अस्वस्थ करप; सुस्तेतल्यान जागो करप; • **shaky** (adj) लडलडपी; अस्थीर; मोडुंक, कोसळूंक आयिल्लो.

shale (n) शिलेटीची फातर; पाटयांवरी घर काढूं येतात अशी फातर.

shallot (n) दिसूंक आनी रुचीक लसणी भाशेन कांदो.

shallow (adj) उथळ; उखलापो; खोलाय नाशिल्लो.

shamble (v) (जाणट्यांचें) पांय ओडीत चलप.

shambles (n) कसाब-घर; रगताच्या पाटांची मुवात; □ गदळ; अस्ताव्यस्त अवस्था.

shame (n) लज; फजेत; पच्ची; • **shameful** (adj) (करणी) लजेक घालपी; लज दिसपासारकी; • **shameless** (adj) निलाजरो; निसूक; कोडगो; निगरगट्ट; झोंड; शिमरो; शिमुडडो; निर्लज्ज.

shampoo (n) (घो) शांपू; माथ्याचे केंस धुवपाचो एक जिनस; • (v) केंस शांपून धुवप.

shank (n) धोंपर आनी खुब्यामदलो भाग; पांयाचो नळो; □ मळसुदीचो (स्क्रूचो) वेडो नाशिल्लो भाग.

shanty (n) खोंप; कोलवाचें घर; □

तारवट्याचें गीत.

shape (n) जायेस; भायलो रुपकार; आकार; आकृताय; □ सांचो; मूस; आयट; □ तरा; मांडावळ; • **(v)** रूप दिवप, येवप, निर्माण करप; आकाराक येवप; मांडावळीन करप; येवजण आंखप; • **shapeless (adj)** रूप वा आकार नाशिल्लो; अबड दबड; • **shapely (adj)** सोबीत; आकारान योग्य असो; जायेसान जथापथ.

share (n) (घो) शॅर; भाग; वांटो; अंश; धंद्यांतलो भाग; □ आक्सांव; □ जोतायें जघल; • **(v)** वांटप; वांटो घेवप; वांटून घेवप; वांटेकार जावप; • **share broker (n)** शॅर दलाल; • **shareholder (n)** (कंपनीचो) भागधारक; कंपनींत जाचे शॅर आसात असो; वाटेकार; भागीदार.

shark (n) (घो) शार्क नुसतें; विकराळ हातांचो दर्यांतलो एक प्राणी; □ शिद्दनिशिद्द बाळगिनासतना पयशे लुबाडपी; नाडगो; लुचको.

sharp (adj) धारेचो; तीक्ष्ण; □ (रस्त्यार मोडण, देंवण) अकस्मात येवपी; खर; (आवाज) कान किटोवपी; (नदर) भितल्लो थाव घेवपी; (कान) सादूर; (दूख) सोसूंक कठीण अशी; (वास) मिरमिरीत; (बुद्द) तरतरीत; (वारो) चाबरो; (उतरां) लागसारकीं; • **sharpen (v)** धार काडप, लावप; तोंक काडप; खर करप,जावप; • **sharpener (n)** धार, तोंक काडपाचें साधन (पेन्सील शार्पनर); • **sharper (n)** नाडगो; घातकी; हातासपी; • **sharp tongued (adj)** दुखोवन उलोवपी; केणपी.

shatter (v) कुडके-कुडके करप, जावप; तिसत्यो करप, जावप; चुरो करप, जावप; भंगप, भंगोवप.

shave (v) वाखरान, पात्यान केंस तासप; खाड करप; □ साली तासप; □ गोरवांचें चरवाक तोंड लावप; • **(n)** तासप; खाड (करप); • **shaver (n)** खाड करपाचें, तासपाचें उपकरण; वाखर.

shawl (n) शाल.

sheaf (n) (भाताचो) गोंडो; घोंस; तुरो; □ (तणाचो) भरो; मोवळी.

shear (v) कातरीन कातरप; □ (सत्ता बी) काडून घेवप; सत्तेवयल्यान निखळावप; □ लुटप; □ फुटप; मोडप; • **shears (n)** दोन पात्यांचें कातरपाचें उपकरण; कातर.

sheath (n) तरसाद, सुरी बी दवरपाची पोती; म्यान; □ विजेसरयेवयलें आवरण; • **sheathe (v)** पोतयेंत, म्यानींत घालप; धांपप; □ दावकुलां भितर ओडून घेवप; □ लडाय सोंपोवप.

shed (n) शेड; आसरो; आलाशिरो; मांगर; बागेल; पांखें आशिल्ली उकती सुवात; • **(v)** (दुकां बी) गळोवप; (पांखां, कात बी) सोडप; वेगळावप; स्पश्ट करप; मनांतल्यान काडून उडोवप.

sheen (n) चकचक; लकलक; तेज.

sheep (n) मेंढरां, बोकडां बी; □ भिजूड मनीस; • **sheep-dog (n)** मेंढरांक, बोकडांक बी राखपी सुणो; • **sheep-fold (n)** मेंढरां-बोकडांचो मांगर; • **sheepish (adj)** भिजूड; अजागळ; झेंगो; भिडेस्त; लजेस्त.

sheer (v) मार्ग सोडून दुसरे वाटेन वचप; कूस मारप; आंग फाटीं काडप; **(n)** सुळको; तेमूक; देगण; • **(adj)** शुद्ध; सामको; आरपार; • **(adv)** सामकें (पिशेपण).

sheet (n) चादर; फोल; पत्रो; हारसो; □ दोरखंड; • **(v)** चादर पातळावप; धांपप.

shelf (n) (घो) शॅल्फ; दोन फुकट्यांचेर आडवी घाल्ली फळी; कत्रेलांतली, आरमारींतली आडवी फळी.

shell (n) (फळाची) साल; (नाल्लाचें) सोण्ण; (तांतयाचें) कल्ल; (कांसवाचें) कट्टें; □ शिपी; घूल, शंख, करप बी; • (v) सोलप; □ नाळींतल्यान गुळे सोडप; फार-पेट करप; • **shellfish** (n) कट्टें आशिल्लें नुसतें (कालूं, तिसरी, खुबो बी); • **shell out** (v) पयशे काडून दिवप; फारीक करप.

shelter (n) आलाशिरो; वारें-वादळ वा संकश्टा वेळार राखण दिवपी साधन; आडस; थांबो; माटव; गोप; भितोड; • (v) आलाशिरो दिवप; राखण करप; आस-याक राखप; आमरो जावप; • **shelterless** (adj) उबत; वाचार पडिल्ला; आलाशिरो नाशिल्लो.

shelve (v) कुशीक दवरप; (विचार) फुडारार, लावणेर उडोवप; काडून उडोवप; सोडुक लावप; □ वयर फळयेर दवरप.

shenanigan (n) विस्वासघात, मयदिभायलें वागणें; तडडक.

shepherd (n) धनगर; शेळयो राखपी; □ धर्माधिकारी; पाद्री.

Sheraton (n) धींमस शेरटन हो इंग्लीश कारागिरान केल्ल्या फर्निचरकडेन जुळटे फर्निचर.

sheriff (n) (पो) शरीफ; (वेंचून काडिल्लो वा नेमिल्लो) शारातलो भावमानस्त नागरीक.

Sherpa (n) हिमालयाच्या तळाकडली जमात (पर्वत चडपाचो सवय आशिल्ली).

shield (n) शस्त्राची आगार पडपी धपको आडावपाचें कट्टें; शिरस्त्राण; ढाल; □ बताची ताप आडावपी तोपी; आलाशिरो दिवपी कसलेय साधन; □ खेळासंतति दितात तें धालींभाशेन इनाम; • (v) (संकश्टापासून) राखप; लिपोवप; आडसाक दवरप.

shift (v) हालोवप; बदलप; (खतां बी) काडप; • (n) (पो) शिफ्ट; कामगाराची वावरची पाळी; पाळयेच्या कामगारांचो पंगड; □ अडचण पयसावपाची मांडणी; बदल; • **shiftless** (adj) फुडें सरपाची, परिस्थिती बदलपाची उमेद वा हावेस नाशिल्लो; सुस्त; आळशी; • **shifty** (adj) (जबाबदारी) फापुडपी; बदलपी; तडडकी; नाडगो.

shilling (n) (पो) शिलींग; ब्रिटीश नाणें; पाऊंडाचो विसावो वांटो.

shilly-shally (v) अनमनप; गडबडप; फाटींफुडें वावप.

shimmer (v) जिळमिळप; लुकलुकप.

shin (n) पांयाच्या नळ्याचो फुडो; • (v) (खाडू घालून माडयेर बी चडटात तशें) चडप.

shindy (n) बोंबाट करून केल्लें झगडें.

shine (v) चकचकप; चकचकावप; लकलकप; उजवाडाचो झोत सोडप; किरण फांकारप; □ तरतीत दिसप; □ परिक्षेत बी नाव जोडप; नाव करप; □ (बुटाक बी) पॉलीश करप; • **shiner** (n) चकचकपी जिनस; • **shiny** (adj) चकचकीत, लकलकीत.

shingle (n) वेळेवयल्लो संकरो; संकऱ्याची सुवात.

shingles (n) चरतें, दाद बी कातींचो रोग; सर्पी.

ship (n) बोट; इंजिनाचें व्हड तारूं; • (v) तारवार म्हाल भरप; म्हाल धाडप; • **ship chandler** (n) बोटींक गरजेच्या सामानाची पुरवण करपी व्यापारी; • **shipment** (n) तारवावयल्यान धाडपाचो म्हाल; तारवार भरिल्लो म्हाल; • **shipper** (n) तारवावयल्यान म्हालाची हाड-व्हर करपी कंपनी; • **shipping** (n) तारवावयल्यान

म्हालाची हाड-व्हर करपाचो वेवसाय; □ कंपनीचीं वा सरकाराचीं तारवां; • **shipwreck (n)** तारवाक दर्यांत जाल्लो अपघात (फुटप, उजो लागप बी); अपघातांत सांपडलेलें तारूं; • **shipwright (n)** तारवां बांदपाच्या वेवसायांतलो तंत्रज्ञ.

shirk (v) (लागणूक, जबाबदारी) टाळप; कामचोरपण करप; कूस मारप.

shirt (n) (घो) शर्ट; खमीस; • **shirting (n)** खमसां करपाचें लुगट.

shiver (v) भयान थरथरप; शिंयान कुडकुडप; □ कुडके कुडके करप; • **(n)** थरथरो; आंकडी; कुडकुडो; □ कुडको.

shoal (n) उथळ उदकाची सुवात; सुकते वेळार दिसता तो उदका पोंदचो तळपी वा रेवेचो जागो; □ नुस्त्यांचें भिरें; मनशांचो जमो; वस्तूंचो पुंजो; • **(v)** उथळ करप; पुंजा जावप.

shock (n) (घो) शॉक; (आपटून बसता तो) धपको; (मनाक बसपी) धक्को; धसको; (विजेचो) धक्को; □ तणाचें गुडवें; कुडें; □ केंसांच्यो जटा; • **(v)** शॉक बसप; धपको; धसको; धक्को बसप वा दिवप; खप्प, कल्ल जावप; • **shock absorber (n)** धपको पेलपाचें वाहनाक लायिल्लें साधन; • **shocker (n)** पाडो मनीस; नश्टी वस्त; कित्याचीय वायट पत; उणाक रुचीची कादंबरी वा सिनेमा; • **shocking (adj)** धक्को दिवपी; कल्ल, खप्प करपी; भयाचो; • **shock-proof (adj)** धपको सोंसपाची तांक आशिल्लो; धपको बसल्यार इबाडना असो; • **shock therapy treatment (n)** विजेचो धक्को वा थरथरावपी इंजेक्शन दिवन मेंदवाक केल्ले भलायके-उपचार; • **shock wave (n)** व्हड गुन्याव घडिल्ल्यान समाजांत आयिल्लें तिडकेचें ल्हार.

shoddy (adj) उण्या पांवड्याचो; उणाक; नकली.

shoe (n) बूट; मोचो; व्हाण; खडाव; □ बैलाच्या वा घोड्याच्या खुरातळाक मारतात तो नाल; • **(v)** नाल मारप; • **shoehorn (n)** बुटांत पावल सोंपेपणी रिगूंक वापरचेलें कुलेर; • **shoemaker (n)** मोचे करपी कारागीर; • **shoetree (n)** लाकूड वा धातूची बुटाची अखंड आकृताय (बूट तयार करतना कारागीर वापरतात).

shoot (v) (आर्मान) फार मारप; (धणूंतल्यान) तीर सोडप; जितो मारप; (उतराचे) फार सोडप; (फुटबॉल खेळांत) शूट मारप; फिल्म 'शूट' करप; □ कोंबरी येवप; • **(n)** कोंबरी; आंकूर; फागूर.

shop (n) म्हाल किरकोळीन मेळपाचें दुकान; मांड; पसरो; • **(v)** पसऱ्यार म्हाल घेवप; • **shop around (v)** बरो आनी सवाय म्हाल सोदपाक बाजारांत भोंवप; • **shopkeeper (n)** पसरकार, दुकानाचो धनी; • **shoplifter (n)** पसऱ्यांतलो जिनस फारावपी मनीस; • **shopping (n)** जिनस विकतो घेवंक बाजारांत मारिल्ली भोंवडी; खरेदी; • **shopping centre (n)** व्यापारी संकूल; जंय दुकानां आसात अशें केंद्र; खासा बांदिल्लें मार्केट; □ तिटो; बाजार.

shore (n) दर्याचो, न्हंयचो बी कांठ; तड; धड; वेळ; □ भरती आनी सुकती हांचे मदली सुवात; □ आधार; धिगी; तेंको; • **(v)** तेंको, धिगी दिवप; • **shoreline (n)** दर्याचे, न्हंयचे वेळेक तेंकपी उदकाची कड, ओळ; • **shoreman (n)** कांठार रावतिका करपी; • **shoreward (adv)** कांठासरीं; कांठावटेन.

short (adj) ऊंचायेक, लांबायेक बी

उणो; गिड्डो; मोटवो; (आकारान, वेळान) लहान; (रक्कम) उणी; उणो; • (adv) अचकीत; वेळापयलीं; • **shortage** (n) उणाव; खूट; तूट; नुसरवण; नभर; • **short change** (v) मोड वा वरकड पयशे उणे दिवन फटोवप; • **shortcoming** (n) उणेपण; दोश; त्रूटी; • **short-cut** (n) बेगीन पावपाची आडवाट; कळाव वा वावर उणो करपाची मांडणी; • **shorten** (v) उणो करप; जावप; आटोवप; आटप; • **shortfall** (n) नुसरवण; खूट; तूट; उणाव; • **shorthand** (n) (घो) शॉर्टहँड; लघुलिपी; लघुलेखन; • **short-lived** (adj) उणें जिवीत जगपी; उणो तगपी; खिणयाळो; • **shortly** (adv) गेल्लडोच; थोड्या वेळात; इतल्यात; • **short story** (n) लघुकथा; • **short tempered** (n) गेल्लडोच तापपी; • **short term** (adj) थोड्या काळापुरतो; • **short-sighted** (adj) जाका पयमुल्लें दिसना अशो; □ जाका दूरदृश्टी ना अशो; • **short term** (n) अल्पकाळ; • **short winded** (adj) थोड्याच श्रमान धापेता, खरगेता असो.

shot (n) (घो) शॉट; फार; फारचो आवाज; □ गुळी; छर्रो; मुनिमाव; □ खेळात मारिल्लो 'शॉट'; □ फिल्मातलो 'शॉट'; □ बगदाचो 'शॉट' (इजेक्शन); • **shotgun** (n) तुबक; बंदूक; आर्म.

shoulder (n) खांद; • (v) खांदार घेवप; पत्कर घेवप; पेलप; □ बाखादी मारून फुडे सरप; • **shoulder blade** (n) खांदाफाटलें रूंद चेपटें हाड; • **shoulder to shoulder** (adv) खांदाक खांद लावन; सांगातान; वांगडा.

shout (n) आलेट; आरड; उलो; किळांच; हुयेल; • (v) आरडप; आरडून सांगप; हुयेल मारप; बोब मारप; तापप.

shove (v) धुकलप; • (n) बखांदी.

shovel (n) (घो) शॉवेल; खोऱ्याचें काम करपी मोटें यंत्र; □ खुरपें; खोरें; • (v) रास करप.

show (v) दाखोवप; दिसपासारको करप; दर्शन घडोवप; सिद्ध करप; • (n) सिनेमा-नाटकाचो खेळ; प्रदर्शन; □ बतावणी; भपको; नखरो; • **show business** (n) नाटक, सिनेमा, गायन बी वेवसाय; • **show case** (n) (घो) शो-केज; सोबेच्यो वस्तू दवरपाची आरमार; • **show-down** (n) बळाची परिक्षा, प्रदर्शन (ते पामत लटापट, संघर्श); • **showground** (n) प्रदर्शनाची सुवात; • **showman** (n) नाटकां, सिनेमा बी निर्मुन सादर करपी; वेगळ्यो कलाकृती सादर करून मनोरंजन करपी; • **showroom** (n) (घो) शो-रूम; मांडणेन दवरलेल्या वस्तूंचें दुकान; • **good show!** (int) बेस बरें! (कितेंय मनासारकें जाल्लें दिसतकूच काडपाचीं उतरां).

shower (n) शिवर; पावसाचो शिवर; दडक; □ कसलोय शिवर; □ न्हावपाचो 'शॉवर'; • (v) शिवर घालप, पडप; □ शॉवरापांदा न्हावप; • **showery** (n) पावशें (वातावरण); • **showerproof** (adj) पावस लागना वा पावसाक बाडगना असो.

shrapnel (n) सुरंगाउपरांत उसळटा तो धातूचो, पत्र्याचो कुडको.

shred (n) तिसती, फाळी, वादरी; • (v) (कागदाच्यो, लुगटाच्यो बी) तिसत्यो, फाळ्यो, वादऱ्यो करप.

shrew (n) झगडाळ बायल; कर्कशा; □ चिचोंदर.

shrewd (adj) शाणो; शिटूक; धूर्त; बुदवंत; • **shrewdness (n)** बुदवंतकाय; शिटूकसाण; □ बामणबुद्द.

shriek (v) आड्डप; किळांच मारप; • **(n)** किळांच; हुयेल.

shrill (adj) कान किटसारको (आवाज); काळीज भेदपी (किळांच).

shrimp (n) सुंगट; □ पिटीस.

shrine (n) यादस्तीक दवरपाची सुवात; पवित्र स्थळ; जातूंत पवित्र वस्तू दवरलेल्यो आसतात अशी नक्षीची कास.

shrink (v) (लुगट) आटप; आंखडप; आंवळून येवप; □ फाटी सरप; (जबाबदारेंतल्यान) आंग काडप.

shrivel (v) बावप; सुकप; सुकोवप; मिरयो पडप.

shroff (n) म्हाजन; □ पयशांचो वाटाव करपी; हुंडेचो वेव्हार करपी; दलाल.

shroud (n) मेल्ले कुडीचेर घालचेलें वस्त्र; धुवट; • **(v)** लिपोवप; धांकणें घालप.

shrub (n) झोप; झिलकूट; झील.

shrug (v) अजाप वा अज्ञान परगटावंक भुजां वयर काडप.

shudder (v) कुडकुडप; थरथरप; • **(n)** कुडकुडो; थरथरो.

shuffle (v) पांय घसटीत चलप; □ इस्पिको, कार्डां पिसप.

shun (v) टाळप; पयस दवरप.

shunt (v) (आगगाडयेन) रूळ बदलप; फाटींफुडें वचप.

shut (v) धांपप; धांपून घालप; मेटप; बंद करप; बंद जावप; • **shut down (v)** कारखानो बी बंद दवरप; • **shut off (v)** चलता तें यंत्र बंद करप; व्हांवता तें बंद करप; □ कुशीक दवरप; • **shut up (v)** उलोवप बंद करप; वोगी रावप; • **shut up! (int)** तोंड बंद कर!

shutter (n) (घो) शटर; दुकानाचें बी शटर; कॅमेऱ्याच्या भिंगावयलें शटर; जनेलाच्या दोन बागलांतलें, आदुफांतलें एक.

shuttle (n) (घो) शटल; हातमागाचो, शिवणयंत्राचो एक पार्ट; □ अंतराळ-यानाचें शटल; • **shuttle service (n)** दोन लागींच्या थाण्यांचेर यो-वच करपी वाहन-सेवा.

shy (adj) लजेस्त; भिडेस्त; □ भिवकुरो; भिजूड; • **(v)** भयान कुशीक सरप.

Siamese twins (n) पोटां वा फाटी दशिल्ले अवस्थेंत जल्मल्लीं जुवळीं.

sick (adj) पिडेस्त; जाका पुरो जालां असो; जाका चकनळटा, ओंकूंक येताशें दिसता असो; • **sicken (v)** वीट दिसप; चकनळप; पिडा भोगप; बेजार दिसप; • **sickly (adj)** पिडेंखोर; धवपाण पडला असो; भलायकी नाशिल्लो; • **sickness (n)** पिडा; धाम.

sickle (n) विळो.

side (n) कड; कडवळ; कूस; तड; दिका; पक्ष; बाजू; वट; शीम; □ कागदाची, लुगटाची बी वट; □ कुडीची दावी उजवी वट; दोंगराची वट; • **side effect (n)** वखदाचो बरो वा वायट परिणाम; • **sidelight (n)** कुशीक लायिल्लो दिवो; • **sideline (n)** अडे-वेवसाय; फुटबॉल, हॉकींत कुशीची ओळ; • **side-place (n)** असकड; • **side-step (v)** कुशीक सरप; फाटीं सरप; टाळप; • **side-track (v)** कडसरावप; करतालो तें सोडून दुसरें करूंक घेवप; • **sidewalk (n)** फुटपाथ; रस्त्याकुशींतली पांयवाट; पासय.

sideral, sidereal (adj) नक्षत्रांसंबंदीत.

sidle (v) कडसरप; कूस मारप.

siege (v) सैन्यान रेवाडो घालप (शाराक, किल्ल्याक बी); • (n) रेवाडो.

siesta (n) दनपारचो विसव; दनपारचें आड पडप, पाती लावप.

sieve (n) चाळण; • (v) चाळप.

sift (v) चाळणींत घालून चाळप, वेगळावप; ◻ बारिकसाणेन नियाळप; फापडप; आसडप.

sight (n) पळोवपाची तांक; दृष्टी; दिश्ट; नदर; दोळे; नदरेचो आवाठ; ◻ देखाव; • (v) अचकीत दिसप; लक्षांत येवप; • **sightseeing** (n) सोबीत थळां पळोवपाची भोंवडी.

sign (n) कुरू; खुणा; चिन्न; पाटी; निशाणी, खुमा; म्हायतेचो तकटो; इशारत; • (v) निशाणी, सय करप; कुरवानी सागप; • **signboard** (n) (घो) सायन-बोर्ड; लोकाक कितेय कळीत करचेली वाटेवयली पाटी; • **signpost** (n) वाटेर गांवाचें नांव, दिशा, अंतर बी दाखोवपी पाटी.

signal (n) (घो) सिग्नल; इशारत; शिटकावणी; संदेश; शिटयेचो आवाज; उजवाडाचो झोत वा हाताची बी खुणा; ◻ रेल्वेचे सिग्नल; ◻ रेडियो सिग्नल; • (v) (पोलिसान बी) इशारत करप; • **signalman** (n) गाडयेक सिग्नल दाखोवपाचें काम करपी.

signature (n) निशाणी; सय; निशाणी म्हणून लायिल्लो आखाणो.

signify (v) अर्थ आसप, जावप; खुणेन व्यक्त करप; • **significance** (n) अर्थ; म्हत्व; • **significant** (adj) बरोच अर्थ वा म्हत्व आसा असो; म्हत्वाचो; अर्थभरीत.

silage (v) खड्डयांत धापून दवरलेली पालय (चरव ताजो उरूंक).

silence (n) किण्ण; मौन; शांतताय; थंडाय; • (v) शांत, थंड करप; तोंड बंद करप; आवाज बंद करप; आवाज अंदप; हालचाल बंद करप; • **silencer** (n) (घो) सायलन्सर; आवाज उणो करपी साधन; • **silent** (adj) किण्ण; थंड; शांत; मोनो; मख्ख; ◻ जो मत परगटायना असो; • **silently** (adv) मोन्यानी; नुलयत; तक्रार करिनासतना; जागमाग लायनासतना.

silex (n) कुपादर; चकमक.

silhouette (n) सावळे-चित्र (फाटल्यान उजवाड घाल्ल्यान जें मुखार दिश्टी पडटा).

silica (n) (घो) सिलिका; कुपादर.

silk (n) (घो) सिल्क; सेद; रस्म; रस्माचें लुगट; • **silkworm** (n) रस्म दिवपी किडो.

sill (n) कुडींतल्या जनेलापोदची फळी (शॅल्फ); जनेलाचे चौकटी पोंदची पट्टी.

silly (adj) अकलेन उणो; मूर्ख; आचरट.

silt (n) न्हंय वा तळ्यांत एकठावल्लो रेबो, चिखल.

silvan (adj) रानवट; जंगली; ◻ गांवगारो; खेड्यांतलो.

silver (n) रुपें; चांदी; • (adj) रुप्याचो; रौप्य; • **silver coin** (n) रुप्याचें, चांदीचें नाणें; • **silverware** (n) रुपावत; • **silver jubilee** (n) रुप्या-सुवाळो; रजत जयती; पंचवीस सप्तकां वा वर्सां बालाडली म्हणून समारंभ; पंचविसावो जल्मदीस बी; • **silver screen** (n) सिनेमाचो पड्डो; • **silversmith** (n) रुपावत करपी कारागीर; शेट; सोनार.

silviculture (n) रानांचो सांबाळ, उदरगत बी; रानांचो अभ्यास.

simian (n) एक माकड.

similar (adj) (अमक्या तमक्या) सारको, भाशेन; मेळटो-जुळटो; तुळेन बराबर; समा;

तसोच.

simile (n) उपमा; दृश्टांत; • **similize (v)** उपमा दिवप; दृश्टांत दिवन समजावप.

simmer (v) खतखतप, सळसळप; □ (रागान) फुगार जावप; भितल्ले भितर खवदळप; • **(n)** खतखतो; सळसळ; खवदळ.

simoom, simoon (n) अरबस्तानांत व्हांवपी मोडाचें हून वारें.

simper (v) पिशाभाशेन आपलेभितर हांसप.

simple (adj) सादो; निर्मळ; निखळ; उजू; □ बाबडो; भोळो; जाका सोंपेपणीं फटोवं येता असो; □ किचकनडीचो न्हय असो; कुंप्लीकाद न्हय असो; • **simple hearted (adj)** मनान निर्मळ; सादो-सरळ; निश्कपट; • **simple minded (adj)** जाची तकली चलना असो; सादो; • **simpleton (adj)** भोळो; अरवळ; घळ; येंडो; • **simplicity (n)** सादेपण, भोळेपण; • **simplify (v)** सोपें करप; • **simplistic (adj)** पळोवंक खरें पूण प्रत्यक्षांत चूक; एकतर्फी.

simulate (v) सवंग करप; तड्डक करप.

simultaneous (adj) एकाच वेळार; त्याच वेळार.

sin (n) पातक; (नितीक नदरेन) पाप; नश्टी करणी; गुन्याव; • **(v)** पातक करप; गुन्याव करप; • **sinless (adj)** पातक करूंक ना असो; निश्पाप; • **sinner (n)** पातकी; पापी.

sincere (adj) प्रामाणिक; निश्कपट; खरो; • **sincerity (n)** प्रामाणिकपण; खेरपण; पत.

sinecure (n) बसून जोड; जापसालदारकी ना अशें पद; उण्या वावराची नोकरी.

sine die (adv) अनिश्चीत काळामेरेन.

sine qua non (adj) (अट, गजाल) सामकी गरजेची.

sing (v) गावप; पद म्हणप; □ गूण गावप; □ कोगळीन गावप; शेवण्यान चिंवचिंवप; किड्यान किरकिरप; • **singer (n)** गावपी; गायक; गवय; □ गावपी कवी.

singe (v) हुलपप; हुलपावप; लासप; वयणप.

single (adj) एक; एकूच; एकोडो; एकसुरो; □ आंकवार; □ प्रामाणिक; □ वेगळो; • **(v)** वेंचून काडप; • **single combat (n)** दोगांभितर एकोड्यान झूज, लटाफट, खुस्ती बी; • **single-handed (adj)** एकलोच (वावुरपी); आधाराक कोण ना असो; • **single ticket (n)** फकत वचपाची एकतर्फी तिकेट; • **single decker (n)** माळी नाशिल्ली बस वा गाडी; • **singles (n)** एकोड्यांचो खेळ; • **singly (adv)** एकल्यानूच; एकेक करून.

singular (adj) एकलो; वेगळो; अप्रुपाचो; □ कोल्ली; □ (व्याकरणांत) एकवचन; • **singularity (n)** खाशेलकाय; खेरीतपण; असामान्यताय; विशेशताय.

sinister (adj) अमंगळ; अशूभ; दुश्ट; पाडो; □ दिसूंक भयांकृत.

sink (v) बुडप; बुडोवप; देंवप; देंवोवप; पडप; □ (सूर्य) अस्तमप; □ मंद पडप; खचप; जिरप; खणप; खोल-खोल वचप; □ भलायकी इबाडत वचप; बुडत वचप (मरत वचप); • **(n)** नळापोंदचें उदक वचपाचें आयदन; कोळमी.

sinology (n) चीन देशाच्या इतिहासाचो, संस्कृतायेचो बी अभ्यास.

sinus (n) (घो) सायनस; नाकांतल्या भितल्ल्या हाडाची पोकळसाण; □ नासूर.

sip (v) थोडें-थोडें सुर्‌-सुर्‌ करून पियेवप; रूच घेत पियेवप; • **(n)** अशें पियेतना घेतिल्लो घोंट.

siphon (n) वांकडी नळी (उदक एका आयदनांतल्यान दुसऱ्या आयदनांत ओडपाची).

Sir (n) (मानार्थी उतर) महाशय; महोदय; बाब; सायब; □ कांय देशांनी एक बिरूद.

siren (n) (घो) सायरन; शिटकावणेची पिल्लूक; शिटी; इशारत; □ जलपरी.

sisal (n) घट्ट धवो धागो; सुतली.

sissoo (n) शिसवी लाकूड; शिसो.

sister (n) भयण; भगिनी; ताई; □ (घो) सिस्टर; □ वरिश्ट नर्स.

sit (v) बसप; बसोवप; (परिक्षेक) बसप; (बसकेचे) सत्र चालू आसप; • **sit in (n)** निशेध-बसका; • **sitting (n)** बसका; बसकेचो वेळ; • **sitting-room (n)** बसपा-उठपाचें साल.

site (n) (घो) सायट; थळ; सुवात; जय उकते सुवातेर बादकामाचो बावर चलता तो जागो; • **site plan (n)** थळ-नकसो.

situation (n) थळ; सुवात; स्थान; □ स्थिती; परिस्थिती; दशा; आवतिकाय; सद; वातावरण; प्रसंग; □ नोकरी; पद; □ उद्देग; • **situate (v)** स्थापन करप; थारिल्ल्या जाग्यार दवरप; • **situated (adj)** जाग्यार, स्थानार आसपी; आवतिकायेंत, परिस्थितींत आसपी.

six (n) स (संख्या; अंक); (इस्पिकेंतलो) सको; • **sixer (n)** (घो) सिक्सर; सको; षटकार; एका धपक्यांत काडिल्ल्यो क्रिकेटीच्यो स धांवड्यो.

size (n) आकार; माप; विस्तार; व्हडाय; लाबाय-रुंदाय; • **(v)** आकार दिवप; खळींत काडप; • **sizable (sizeable) (adj)** बरोच मोटो, व्हड; लांबरुंद; अगडबंब.

sizzle (v) (तळटना जाता तसो) चुर्‌ आवाज जावप, करप.

skate (v) बर्फाचेर भोंवप; • **(n)** बर्फाचेर भोंवपाचे बूट; बुटाक मारिल्ली पट्टी; □ एक नुसतें.

skein (n) सुताची लडी; □ उडट्या हांयसाचें भिरें.

skeleton (n) कांटो; अस्थिपंजर; हाडांचो सांपळो; सांगाडो; □ काम चलोवपाक उण्यांत उणो लोक; □ बरपाचो सार; संक्षेप.

skeptic, (sceptic) (adj) दुबावी मनीस; धर्मतत्वांच्या खंरेपणाविशीं दुबाव खावपी.

sketch (n) (घो) स्कॅच; रुपकार; नकसो; कच्चो आगखडो; भायलें चित्र; □ लहानशें बरप, नाटकुलें बी; □ सवंग कसो दिसपी मनीस; • **life sketch (n)** थोड्या उतरांनी जिवीत-वळख.

skew (adj) पालसो; तिरसो; एके वटेन लकिल्लो, लंवह्ल्लो; बागवल्लो; • **skew-eyed (adj)** तिरसो.

skewer (n) तॉकाची सळी; सळय (जो मांसाच्या कुडक्यांत तोपून मांस भाजतात); • **(v)** तोपप.

ski (n) स्की; बर्फावयल्यान सुळसुळत वचपाक म्हणून बुटाक लावपाची लाकडी पट्टी; • **(v)** बर्फावयल्यान स्कीच्या आधारान वचप.

skid (n) गाडयेचो देंवणेवयलो वेग मंदावंक चक्रांक लायिल्ली घसारी; • **(v)** गाडी निसरून कडेक पडप; लंवडप.

skiff (n) पनेळ.

skill (n) कळाशी; कुशळताय; फिशालकाय; कला; कारागिरी; • **skilled (adj)** कुशळ; तंत्राचो जाणकार.

skillet (n) लांब मुठीचो तवो.

skim (v) दुदावयली साय काडप; वयलेवयर नदर मारप; पासय मारप; बरयल्ल्याचेर उडटी नदर मारप; मदीं मदीं वाचून लक्षांत घेवप; • **skimmed milk (n)** साय काडिल्लें दूद.

skimp (v) सामकें उणें वा गरजेपुरतें घेवप, वापरप, दिवप, मोडप बी; काम कशाकशे वा सारकीं आवतां नासतना करप.

skin (n) आंगाची कात; चामडी; फळावयली साल; कल्ल; सोल्ल; दुदाची साय; • **(v)** कात काडप; सोलप; कल्लावप.

skinny (adj) आंगान बारीक; भागिल्लो.

skip (v) दोरी-उडयांनी खेळप; कितेंय चुकोवन, टाळून उडी मारप; गाळप; कडाळप; झप करून वचप.

skipper (v) बोटीचो, विमानाचो, खेळा-पंगडाचो बी कपीत; • **(v)** कपीत म्हणून वावरप.

skirmish (n) लटाफट; वादावादी; उतराक उतर.

skirt (n) (घो) स्कर्ट; साय; बायलांचें एक वस्त्र.

skit (n) (घो) स्कीट; थोमणो; टवाळी; • हांसयणें नाटकुलें; प्रहसन.

skulk (v) कामचोरपण करप; (भयान वा वायट इराद्यान) लिपप; लिपून रावप; चोरयां हांगा-थंय भोंवप; • **skulker (n)** कामचोर.

skull (n) मेंदवाचें कंट्रें; वेश्टण.

sky (n) आकाश; मळब; गगन; नभ; □ वातावरण; अंतराळ; • **sky-blue (n)** मळबा-रंग; • **sky-high (adj)** चड ऊंच; • **skylight (n)** घराच्या पाश्टाक उजवाडापासत दवरलेलो बुराक; झरोको; • **skyline (n)** मळबाचे फाटभुंयेचेर दोंगरा-कड; • **skyscraper (n)** अती ऊंच इमारत (चड मजल्यांची).

slab (n) दाट काप वा थर; घरार घालतात तो पाश्टाचो थर (शिमिटाचो बी); □ (आयस्क्रिमाचें) काप.

slack (adj) सदळ; धील; गळगळीत; □ व्यापारांत बी मंदेचें (वातावरण).

slam (v) (दार बी) ढो करून बंद जावप, मारप; ढण्ण करून आपटप; • **(n)** आपटल्ल्याचो आवाज; ढो, ढण्ण आवाज.

slander (v) किचांट घालप; आळ घालप; उणाक उतर दिवप; दुसऱ्याक उबोवप; बदनामी करप; • **(n)** किचांट; आळ; मानहानी; अपमानाचें उतर; बदनामी; • **slanderer (n)** किचांट घालपी; अपमान करपी; दुसऱ्याक उबोवपी.

slang (n) (घो) स्लँग; गिरमीट भास, उतरां; अपभ्रंश; भाशेचो अशिश्ट प्रयोग.

slant (v) एकेकडेन वांकडो जावप; पालसो जावप; कुशीक लंवडप; लकप; वांकडो करप; तिरसो, पालसो करप; □ खबर मीठ-मिरसांग लावन दिवप; • **(n)** तिरशी, पालशी अवस्था; बाग; लकणी; पालसण; □ पळोवपाची तरा; बरपांतलें मत; • **(adj)** लकिल्लो; लंवडल्लो; पालसो.

slap (n) थापट; थापटाचो आवाज; • **(v)** थापट मारप; (पुस्तक बी मेजार) आपटप; थपकटे वस्तून (पालमत्रेन बी) मारप; □ (स्लायसाचेर बटर बी) थपथपावप; • **slap on the back (v)** शाबासकी दिवप.

slash (v) तरसादीन वा सुरयेन चिरप, कातरप; खोल घाय करप; खांपावप; □ घोड्याक चाबकान मारप; मनशाक चाबकांनी फोडप; □ पुस्तकाचेर खर टिका करप; निर्भत्सना करप; □ दर बरेच उणे करप; □ लेखांत बरीच काट-छाट करप; • **(n)** खोल घाय; चीर; कातरण; फाड.

slat (n) पत्र्याची वा लाकडाची अशीर

पट्टी.

slate (n) जिचे थर काढूं येतात अशी पाटी; पाश्टाक बी घालपाची फातर; बरोवपाच्यो पाटयो करपाची फातर; बरोवपाची पाटी; शिलेट; • (v) फातरांचें पाश्ट घालप; □ कार्यावळीचो, खेळाचो वेळ थारावप.

slaughter (n) गोरवांची, बोकडांची बी कापाकापी; □ हत्याकांड; झुजांतलो सांवार; • (v) मांसाखातीर गोरवा, बोकडा बी कापप; • **slaughterhouse** (n) कसाबखानो; जंय गोरवां बी मारतात ती सुवात.

slave (n) एकल्यान दुसऱ्याक विकिल्लो मनीस; दास, गुलाम; बंदो; बेटीचो मनीस; □ नादी; नादयो; व्यसनाचे भक्कीक पडिल्लो; • (v) घाण्या-बैलाभाशेन कश्ट काडप, वावरप; • **slavery** (n) गुलामी; दासपण, दासप्रथा; बेट, • **slavish** (adj) गुलाम कसो, बंदो कसो; गुलामी (वृत्ती); □ उणाक; हलकट; स्वताची इज्जत नाशिल्लो

slay (v) जितो मारप; वध करप.

sleazy (adj) नांव घाणायल्लो; हळशिकावणो, कळिंदी; उस्तवारी नाशिल्लो.

sledge (n) बर्फाचेर चलपी चक्रा नाशिल्ली गाडी; • **sledge-hammer** (n) घण.

sleek (adj) गोमटो; मोवमोव; विळविळीत; नाजूक; लिकलिकीत (केस; कात); ठाकठीक; आगापागान भरिल्लो; □ उलोवंक चतूर; □ लापीट; जंबात.

sleep (v) न्हिदप; • (n) न्हीद; • **sleeper** (n) न्हिदपी, न्हिदसुरो मनीस; आगगाडयेत न्हिदपाचो डबो; रेल्वे रुळापोंदची पट्टी; • **sleeping** (adj) न्हिदिल्लो; • **sleeping partner** (n) धंद्यात दुडवाची भागिदारी आशिल्लो पूण जाका वावर करचो पडना असो निश्क्रीय भागीदार; • **sleeping-car** (n) शयनयान; रेल्वेचो बी न्हिदून प्रवास करपाचो डबो; • **sleeping berth** (n) रेल्वे डब्यांत न्हिदपाचो बांक; • **sleeping pill** (n) न्हिदे गुळी; • **sleepiness** (n) न्हिदावो; सुस्ती; • **sleepless** (adj) न्हिदेविरयतची (रात); • **sleepy** (adj) न्हिदसुरो; आळशी; सुस्त; □ बोवाळ ना, थंड असो (जागो); • **sleep-walk** (v) न्हिदांत चलप.

sleet (v) पावसावांगडा करे पडप; • (n) कऱ्यांचो पावस.

sleeve (n) (घो) स्लीव; आंगावयल्या कपड्याचो बावळे, हात बी रेवडावपी भाग; खमसाचो, पोलक्याचो हात; शर्टाचो, कुडत्याचो हात; • **sleeveless** (adj) हातकापो; □ आदाव नाशिल्लो; फुक्याचो.

sleight of hand (n) हातचलाखी; करामत; घाडीपण.

slender (adj) उण्या घेऱ्याचो; उणे दाटायेचो; पातळ; एकशिवड; नाजूक; (आवाज) बारीक; नुपुरो; (खर्चाक) पावना असो; (आस्त) सामकी उणी.

sleuth-hound (n) हुंगो सुण्यापेटो; • **the sleuths** (कांय भायल्या देसांनी) गुप्तहेर; डिटेक्टीव.

slew, slue (v) नेटान घुंवडावप; नेटान घुंवप.

slice (n) (घो) स्लायस; पातळ काप; पावाचो, मांसाचो स्लायस; (फळाची) शीर; फाक; □ वाटो; कुडको; • (v) कातरप; कुडके करप; शिरो करप.

slick (adj) चुरचुरीत उलोवपी; चण्या झाडार चडोवपी; हिकमती; करामती; कारस्थानी; चतूर; शिटूक; उमेदी; □ मांडणेन केल्लो; निवळ; चक्क; • (adv) चत्रायेन; हुशारेन; निवळ; ठाक-ठीक; • (n) निसरड; बुळबुळसाण; □ उदकार व्हांवपी तेलाचो

थर; तेलटो; तेंव; • (v) मोव मोव आनी लिकलिकीत करप.

slide (v) निसरप; घसरप; ल्हवुल्हवू वा कळनासतना पातक करूंक तयार जावप; आपशींच आपापूण जावप; • (n) निसरड; घसरण; सरकण; घसरगुंडी; फाटीं-फुडें सरकुपासारकें दार; (घो) स्लायड; सिनेमा स्लायड; कांचपट्टी; □ केंसांचो हूक वा पीन; • **sliding door** (n) फाटीं-फुडें घोळोवंक येता अशें दार.

slight (adj) संख्येन वा आकारान ल्हान; किरकोळ; किरपीण; अशक्त; ल्हवपीक; नकसूद; नाजूक; जातूंत बळ वा सार ना असो; मोवाळ; बाबत; □ इल्लोसो; इल्लो-इल्लो; मातसो; कुसकूटभर; • (v) अनादर करप; अपमान करप; उर्मटायेन वागप; किरकोळावप; किकोत लेखप; तुच्छ मानप; • (n) अनादर; अपमान; तुच्छताय; किरकोळावणी.

slim (adj) एकशिवड; बारीक; किडकिडीत; □ अशीर; साप उणो; □ अंधूक; • (v) मोटाय देंवोवप; व्यायाम करून पथार रावन एकशिवड जावप.

slime (n) खातोण; चिखल; बांबर; रेबकोंड; □ कफ; बोळ; • (v) चिखलान, रेब्यान रेवडावप; • **slimy** (adj) बोळ कसो; कफ, शेंबूड कसो; चिकचिकीत; रेब्यान बुडबुडलेलो; हातांत धरल्यार सुळळ करून निसरपी; □ सायबाजात्रा करपी; लेंग लेंग करपी; □ बिभत्स; हळशिकावणो.

sling (n) गोफीण; कितेंय हुमकळावची दोरी वा सांखळ; कावड; शिंकें; उतब; मोडिल्लो हात वरसो धरूंक खांदावयल्यान घेतात ती पट्टी; ओळकंब; फाटीर आर्म, खांदार कॅमेरा बी हुमकळावपाचो पटो; जड गुळो म्हाल उबारपाची सांखळ; • (v) गोफणीन फातर मारप; शेंवटून मारप; हुमकळायत व्हरून दवरप.

slink (v) गोरवाचें व्हळप; अवेळार वियेवप; • **slink off** (v) (भयान वा गुन्याव केल्ल्यान) पपा काडप; फुज्यो काडप; कूस मारप; पळून वचप; • **slink in** (v) मोन्यानी जाग-माग लायनासतना भितर सरप, घुसप.

slip (v) निसरप; घसरप; फाटी-कण्याचो मणी हालप, निसरप; □ मोन्यानी वचप; नदर चुकोवप कडसरप; □ निसरून पडप; □ (वेळ) वचप; नकळटना वचप; □ चूक करप; □ बांदिल्लो सोडप; (वस्त्र) बेगीबेगीन घालप, काडप; (लक्षांतलो) वचप; • (n) निसरड; घसरण; □ चूक; वायट करणी; आडवर्तन; अपराध; □ लाकडाची बी पट्टी; कागदाचो तीर; तिरांटो; □ सुण्याचो पटो; □ कातरण; • **slipper** (n) घरांत वापरचेलें ल्हव, मोव जोतें; चिनेल; • **slippery** (adj) सुळसुळीत; निसड्डो; हातांतल्यान सुळळ करून पडपी, वचपी; □ पातयेवंक फावना असो; दुबावाचो; अस्थीर (वातावरण); • **slipshod** (adj) जबाबदारी नाशिल्लो; बेपर्वा; आंगचोर; • **slipshod English** (n) तांबडी इंग्लीश; कशाकशीय उलयल्ली इंग्लीश; • **slipway** (n) तारवां उदकांत सोडपाची देंवणी.

slit (n) चील; खांच; कातरो; वेर; • (v) लांब तीर कातरप; नीट लांब कातरो चिरप, पेंचप.

slither (v) निसरडेवयल्यान (तोल सांबाळून) अळंग वचप.

slobber (v) लाळ वा खाल्लें गळोवप; लाळ व्हांवप; □ कळवळून उलोवप, बरोवप.

slog (v) (वस्त) शेवटून मारप; मोखप; □ नेटान हाणप; मूठ मारप; □ सडीक पेटप; □ खूब कश्ट, दगदग काडप; □ चलत रावप; त्रासांनी चलप; नेटान काम करप; • (n)

नेटान दिल्लो धपको; सडीक पेट; □ लागून काडिल्ले त्रास, कश्ट.

slogan (n) घोशणा; गाजोवपाचीं उतरां; □ घोष-वाक्य; नारो.

slop (v) पातळ जिनस खवदळप, उसळप, ओतप; रकप; रकोवप; □ दुकरांक धोण घालप; • **(n)** ओतिल्लो पातळ जिनस; पचपचीत कितेंय पातळ खावचेलें पियेवचेलें; □ धोण.

slope (n) देंवती; घसारी; पालसण; एके वटेन उबारी आशिल्ली जमीन; घाटी; • **(v)** पालसो, देंवतो आसप.

sloppy (adj) (भूंय) ओली; चिकचिकीत; शेळ आयिल्ली; □ पर्वा नाशिल्लो; निश्काळजी; घाळ; □ कळिंद्री; □ काकुटवाणो; □ (सभावान) गळगळो; (वस्त्रां) गळगळीत.

slot (n) लांबोडी खांच (मिलेराची, टपाल पेटयेची बी); □ कसलेय माडावळीत राखिल्ली सुवात; □ दूरदर्शनार खास राखून दवरलेली सुवात, वेळ, □ सावदानी खुरानी केल्लो माग; • **(v)** खांच घालप; खांप दवरप; खांपांत जिस्त बसप; • **slot-machine (n)** नाणें खांचींत घालनाफुडें जाय तो जिनस दिवपी यंत्र.

sloth (n) आळसाय; सुस्ती; आंगचोरपण; • **slothful (adj)** आळशी; सुस्त; जड; आंगचोर.

slouch (v) तकली बागोवन बसप वा उबो रावप; पारपोळ, दशाहीन कसो भोंवप; खांदे गळोवप.

slough (n) रेबकोंड; रेबट; मायण; □ निर्शेणी; अवनत; □ जिवाण्याची कात; • **(v)** कात सोडप.

sloven (adj) कळिंद्री; वावराक घळ.

slow (adj) मंद; मैंगो; सुस्त; मागसार; फाटसार; □ कळावाचो; कळावान जाल्लो, केल्लो; गती, वेग ना असो; ताकतीक ना असो; (चलूंक) सवकास; (घडयाळ) फाटीं रावपी; • **(adv)** सवकास; सवकासायेन; • **(v)** गती, वेग देंवोवप; सवकास करप; • **slowly (adv)** सवकासायेन; हळुहळू.

sludge (n) रेबट; चिखल; चिकणमाती; उदक निवळावंक तांतलो काडिल्लो कचप, गाळ बी.

slug (n) वनस्पत खावपी किडो; आर्मांची खडबडीत गुळी; धातूचो वाटकुळो गुळो; छापखान्यांत दोन ओळींमदीं घालचेली पट्टी; लायनोटायपान तयार केल्ली ओळ; खबरेचो ल्हान माथाळो; • **sluggard (adj)** वावराची आवड नाशिल्लो (मनीस); आळशी; बसून रावपी; • **sluggish (adj)** सुस्त; जड; निश्क्रीय; मंद; रसणाय नाशिल्लो; उमेदीर येना असो; (न्हंय) सवकास व्हांवपी.

sluice (n) (न्हंयतली) मानस; बांदाचे दार; □ मानशेंतल्यान व्हांवपी उदक; पाट; • **(v)** उदक नेटान व्हांवप.

slum (n) शारांतली घाणयारी वसती; झोपडपट्टी; एकठाय आशिल्ल्यो खोंपी; खातोण; • **(v)** झोपडपट्ट्यांनी वचून थंय रावतल्याची परिस्थिती पळोवप; तांकां आधार दिवप.

slumber (n) सुस्त, शांत न्हीद; • **(v)** न्हिदप; न्हिदून म्हत्वाचो वेळ वगडावप; • **slumberer (n)** निद्रासुर; न्हिदून वेळ सारपी व्यक्ती.

slump (n) दरांचो अकस्मात उतार; (वेपारांत) मंदी; □ अर्थीक संकट; □ कसल्याय कामाचो वीट; • **(v)** दर बी अकस्मात देंवप; पडप; (कदेलार बी) घो करून बसप; धपकल मारप; भलायकी इबाडप.

slur (n) निंदा; बदनामी; दूशण; □ दाग; खत; कलंक; □ अस्पश्ट उच्चार, बरप, गावप; • **(v)** अस्पश्ट उच्चारप; हळूच सांगप; पुराय लक्ष दिनासतना रावप; लिपोवपापासत झटपट निवळ करप; उलगप; लिपोवप.

slush (n) स्नो, बर्फ पडून जाता तें चॅकचॅक; चिखल; निरर्थक कळवळो; भोवस्ताळे.

slut (n) दशाहीन कळिंद्री बायल; □ वांकडे चालीची बायल.

sly (adj) हिकमती; कारस्थानी; तिरसुवाद; ढोंगी; दंभी; धूर्त; कोलेबुद्दी; चोरयां कामां करपी.

smack (n) (अस्तित्वाची जाणवीक दिवपी) गंध; वास; रूच; सुवाद; घाण; □ रुचीपुरतो घालपाचो जिनस; □ थापटाचो, चाबकाचो बी आवाज; थापट; धपको; □ (क्रिकेटींत) नेटान मारिल्लो धपको; रूच काडिल्ल्याचो आवाज; उमावाचो आवाज; □ नुसतें पागपाचें होडें; पातमारी; □ एक माण्या-वखद; हिरोयन; • **(v)** पयल्या पावसाचो वास येवप; कसलोय वयलेवयर वास येवप; वास मारप; □ थापट मारप; चाबूक मारप; चाबकान फोडप.

small (adj) आकारान, संख्येन, म्हत्वान बी ल्हान, मर्यादीत; संकुचीत; धाकटो; उणो; थोडो; बारीक; □ ल्हानविकायेचो; खालतो; किरकोळ; • **small hours (n)** मद्याने उपरांतचो वेळ (रातीचो); • **small-minded (adj)** संकुचीत; मोटव्या मनाचो; □ उणाक; • **small-scale (adj)** मर्यादीत प्रमाणांत (धंदो); मर्यादीत रकमेभितल्लो; लघु (उद्देग); • **small screen (n)** दूरदर्शन.

smallpox (n) एक रोग; देवी; असूक.

smart (adj) हुशार; चलाख; धूर्त; □ उलोवंक लापीट; □ चक्क; टक्क; तरतरीत; झकपक; • **(v)** झेत करप; □ झणझणीत लागप; चुरचुरप; □ कळ येवप; वेग मारप; अपमानाची खंत भोगप; बेचैन जावप; • **(n)** थापटाची वा कितेंय लागिल्ल्याची दूख; अपमानाची खंत; जाळ; • **smart aleck (n)** जाणवाय; चड सुबेज मनीस.

smash (v) कुडके-कुडके करप; पिठो, चुरो करप; मोडून घालप; नेटान मारप, आपटप, आदळप; □ धंद्यांत दिवाळें काडप; कोसळप; □ (सिनेमा बी) चड लोकप्रिय जावप; (फाटले उच्चांक) मोडप; • **(n)** आदळळेल्याचो आवाज; वाहनां बी आपटून जाल्लो अपघात; □ नाशें; दिवाळें; चुरो; कितेंय पडिल्ल्याचो आवाज; धपको; • **smashing (adj)** नवलांचो; अपरूप; • **smash hit (n)** एकादऱ्या पदान, सिनेमान बी मेळयल्लें जैत.

smattering (adj) वयलेवयर आयकल्ली गजाल; उणी म्हायती.

smear (v) तेल वा ग्रीज घालप; लेप लावप; (तेल बी) साड्डावप, सारोवप, थापप; सारोवन घाण करप; खत घालप; • **(n)** खत; घाण; कितेंय साड्डायल्लें, लेपडायल्लें.

smell (v) वास येवप, घेवप; घाण येवप; (दर्याविळेर बी) खाशेलो गंध येवप; घमघम सुटप; परमळ येवप; □ हुंगप; □ सुलूस लागप; वास लागप; □ सोदपूस करप; नियाळप; • **(n)** वास; परमळ; घमघम; गंध; घाण; (उबसाण; हुमसाण; खातसाण; घामसाण; कुसट्टाण; करपटाण बी); □ हुंगून लागिल्लो सोद; • **smelly (adj)** मिरमिरीत, □ घाण येता तसो.

smelt (v) खनिजापासून प्रक्रियेन धातू करप.

smile (v) अमुरक्यांनी, मुमुरक्यांनी हांसप;

□ लक्तुबायेन पळोवप; □ दयाळपण दाखोवप; कृपा करप; • (n) अमुरको, मुमुरको हांसो; (देवाची) कृपा.

smirch (v) हळशीक करप; घाण करप; • (n) खत; दाग; काळें; कलंक.

smirk (n) अडचो हांसो; कपटी हांसो; वयलेचाराचो हांसो; • (v) कपटान हांसप; वयलेचाराक हांसप.

smith (n) धातूकाम करपी कारागीर; कामार; कांसार.

smock (n) कारागिरांनी, तंत्रीक काम करतल्यानी आंगार घालचेलो चोगो; बायलाचें सदळ आंगावलें.

smog (n) धुवगें; धुकें आनी धुंवगाची भाम.

smoke (n) धुंवर; विडयेचो, सिगारचो बी सोडिल्लो धुंवर; • (v) धुंवर सोडप; विडी, सिगार ओडप; □ नुमतें, मांस बी बरें तगचें म्हणून धुंवराक दवरप; धुंवगी दिवप; • **smoker** (n) विडी, सिगरेट बी ओडपी; • **smoke-stack** (n) धुंवर भायर वचूक बांदिल्लो चिमणी; धुरांडे; धुवाळें.

smooth (adj) धोंपोंस ना असो; खरखरमाण नाशिल्लो; मुळमुळीत; अडचण, आडमेळें नाशिल्लो; खड्डो (माध्यान); घशिल्लो (टायर); गोड-गोड उलोवन गुठलाचपी; • (v) नितळ, सुळमुळींत करप; खरखरमाण काडप; शांत गवप; • (adv) शांततायेन; धंडपणान; आडमेळ्याविरयत; आडखळ नासतना; यथासांग.

smother (n) सगल्याक व्यापिल्लो धुंवर; धुंवगाचो लोट; धुल्लाचो लोट; • (v) गळो अंदप; आंवळप; □ आडावप; दामप; लिपोवप; □ गोबर, माती घालून उजो पालोवप; □ (उमावांनी) घुसमटावप; पुराय धांपप; घुसमटप; घुसमटून मरप.

smoulder (v) पेटोवप; राग, दुवेस मनांत पेटत रावप; भितल्ले भितर जळप; • (n) पेट; जाळ; भितर्यां उतळताप.

smudge (v) अस्पश्ट करप; लेव करप; दाग घालप; म्हेळो, बुग्सो करप; तींत बी माड्डावप, सारोवप, सगल्याक जावप; लेपडावप; • (n) तिंताचो दाग; काळें खत; □ जीवजंतू मारपाखातीर दिवचेली धुंवगी; धुंवगाचे लोट सोडपी उजो; • **smudgy** (adj) दाग पडल्यात असो; म्हेळो; घाणयारो; □ अस्पश्ट; अंधूक.

smug (adj) आत्ममतुश्ट; अहंकारी; आपल्याच गगनांत वावुरपी.

smuggle (v) (घो) स्मगल; (सरदीभायल्यान) म्हाल चोरयां हाडप; (सरदीभायर) चोरयां धाडप; चोरघंदो, तस्करी करप; (घो) स्मगलींग करप; • **smuggler** (n) (घो) स्मगलर; चोरया सरदेभायर म्हाल धाडपी, भायल्यान हाडपी.

smut (n) काजळ; काजळाचें खत; मशेगें; □ पोजड, उणाक साहित्य, चित्रां बी; पोजड्यो गजालो; • (v) काजळान खतावप; काळें करप; काळे दाग लावप.

snack (n) (घो) स्नॅक; फळार; अडे-खाण; लेव नास्तो; खाण (जेवण न्हय).

snag (n) अडचण; आडखळ; न्हंयत मदींच आशिल्लें मोडक्या रुखाचें मूळ; □ मोडको दांत; □ कितेंय तोंकाचें लागून लुगटाक जाल्लो बोथो; • (v) आडावप; बादिकार जावप; पिंजप; आडखळ येवप; आडावण घालून धरप.

snail (n) कोंगो; गोगलगाय; गोठाण बी; □ सुस्त वा आळशी मनीस; • **snail's pace** (n) कांसवाची, गोगलगायेची गती; मंद चाल; मंद गती; दिगी.

snake (n) जिवाणें; सोरोप; □ तूंब निवळ करपाची मोव कांडी; • **(v)** जिवाण्याभाशेन वांकडें-तिकडें वचप; • **snake in the grass (n)** तणांतलो सोरोप; □ घात मारूंक लिपून राविल्लो मनीस; घातमारो मनीस; • **snake-bite (n)** जिवाण्याचो घांस; जिवाण्याचें चाबप; सर्पदंश; • **snake-charmer (n)** पुंगी वाजोवन सोरपाक नाचोवपी; पुंगीवालो; • **snake-gourd (n)** पडोळें; • **snaky (adj)** सोरपासारको; घातकी; डंखी; वांकडो-तिकडो; □ (सुवात) जिवाण्यांनी भरिल्ली.

snap (v) कट्ट करून फुटप, मोडप, फोडप; भारान कोसळप; चाबप; सट्ट करून उलोवप; □ फोटो मारप; • **(n)** कट्ट करून मोडिल्ल्याचो आवाज; अकस्मात मारिल्लो घांस; □ पातळ विरविरीत बिस्कूत; • **snappy (adj)** कंकासपी; चाबपी; घांस मारपी; चरचर आवाज करपी; □ टक्क; चक्क; नवे मोदीचो; • **snapshot (n)** कॅमेऱ्यान मारिल्लो फोटो; • **snap up (v)** रोखड्यारोखडी संद सादप.

snare (n) शेवणीं वा ल्हान प्राणी धरपाचें साधन; कोयणी; हिरोवणी; □ शस्त्रक्रियेचें साधन (कोयणी, ट्युमराचें मूळ कातरपी); कोणाकूय सांपडावपाची, धरपाची वस्त, गजाल; • **(v)** शेवणीं, प्राणी धरप.

snarl (v) गुरगुरप; गुरंजुवप; □ गुरगुरून उलोवप, सांगप; • **(n)** गुरंजणी; गुरगुरप; भितल्लेभितर भोंकप.

snatch (v) अचकीत ओडून, झोपून काडप; बेगीबेगीन सलवासप; (हाताभायर वतना) जैत झोपून हाडप; वाटावप.

sneak (v) चोरयां वचप; चोरयां हाडप, व्हरप, दवरप; भयाभीत जावप, वागप; • **(n)** चोरयां खबरो दिवपी; चोरयां केल्लें काम; • **sneak thief (n)** उकत्या दारांतल्यान वा जनेलांतल्यान भितर सरून किरकोळ वस्तू फारावपी चोर; भुरटो चोर.

sneakers (n) रबरी मोव तळाचे बूट.

sneer (v) हांसून बकच्छायो करप; तिरस्कारान उलोवप; नाक किल्लसप; वयलो ओंठ वांकडो करून किरकोळावप; हिणसावप.

sneeze (n) शींक; • **(v)** शिंकप; • **not to be sneezed at** जो बाबत न्हय असो; तिरस्कार करपासारको न्हय असो; आपणावपासारको; दवरपासारको; बाळगुपासारको.

snick (n) ल्हान खांप, खांच; □ क्रिकेटीच्या बॅटाक मातसो बॉलाचो स्पर्श; • **(v)** खांप करप; कोनसो कातरप.

snicker (v) भितल्लेभितर हांसप.

snide (adj) कुच्छित्री; नकली; बनावटी; • **(v)** कुच्छित्री उलोवप.

sniff (v) चोंदिल्लें नाक निवळ करूंक स्वास घेवप; हुंगप; • **(n)** सों-सों आवाज; हुंगले उपरांत येवपी वास; • **sniff at (v)** तिरस्कार वा नापसंती परगटावप.

sniffle (v) नाक चोंदिल्ल्यान व्हडान स्वास-उस्वास घेवप; • **sniffles (n)** तकलेंत भरिल्ली थंडी.

snigger (v) भितल्लेभितर हांसप.

snip (v) कातरीन कचकच कातरप; • **(n)** कातरतना जाल्लो कचकच आवाज.

snipe (n) चोरून, लिपून रावन सोडिल्लो फार; • **(v)** लिपून रावन फार सोडप; □ आपूण सुगूर रावन हेरांच्यो बकच्छायो करप.

snippet (n) वाच्यावयली गजाल; ल्हानशी खबर; □ कातरण; कुडको.

snob (n) दंभी; बडवचाराचो; समाजांत जांची चलती आसा तांकां तेंकून रावपी आनी हेरांच्यो बकच्छायो करपी.

snooker (n) बिलियर्ड मेजाचेर खेळपाचो बावीस बॉलांचो खेळ; • (v) दुसऱ्यांक अडचणींत घालप.

snoop (v) दुसऱ्याच्या खासगत जिवितांत नाक घालप; कोणागेर कितें शिजता तें काडूंक भोंवप; • **snooper** (n) हुंगो.

snooze (v) झेम काडप; पाती लावप; • (n) झेम; लकणी.

snore (v) घोरेवप; सोंशेवप; • (n) घोरेवणी; सोंशेणी.

snorkel (n) उदकांत गावन स्वास-उस्वास घेवंक उपकरावचेली वादी.

snort (v) हुमकारप; हुमकारून वींट परगटावप.

snow (n) (घो) स्नो; हीम; □ अंतराळातल्यान पडपी बर्फांचीं पातळ करपां; जमनीर पुजा जाल्लीं हिमाचीं करपां; □ करे; • (v) स्नो पडप; करे पडप; हीमवर्षाव जावप; • **snowflake** (n) वयल्यान पडपी हिमाची, बर्फांची लहवशीक करपां.

snub (v) मुजरत अपमान करप; • (n) मुजरत केल्लो अपमान.

snuff (n) तबाखूची पूड; □ वातीचो काजुलो; • (v) नाकयां (पूड) ओडप; □ काजळी जावप; □ चिमणेचो बी वात पालोवप; वातीचो काजुलो कातरप; • **snuffer** (n) वात पालोवपाची काडी; • वात कातरपाची कातर.

snuffle (v) सोंशेवप; नाकयां उलोवप, सांगप; • (n) सोंशेणी; नाकयो आवाज; शिमरो आवाज.

snug (adj) उबेचो (जागो); लहान पूण मांडावळीची (कूड); ठाकठीक, सुगूरपण दिवपी (मुवात बी); • (v) उबेक बसप; • **snuggle** (v) उबेखातीर (आवयक बी) वेंगावप.

soak (v) उदकांत भिजत दवरप; करमेत दवरप; ओलो चिण्ण करप; भिजोवप; भिजून थापो जावप; पियेवन तर्र जावप.

soap (n) शावू; • (v) शावू लावप; • **soap opera** (n) घरसंवसारीक जिविताचेर टीवी, रेडियो सिरियल, माळ.

soar (v) वयर अंतराळांत वचप, चडप; दर बी वाडत वचप.

sob (v) हुडक्यांनी रडप; हुडक्यांनी रडटना उलोवप; हिमटयो काडप; • (n) हुडको; हिमटी.

sober (adj) चिनान शांत; थंड; गर्द; चितपी; नेमस्त; • **sobriety** (n) शांतपण; थंडसाण; गंभीर वृत्ती.

so-called (adj) तथाकथीत; नांवाचो.

soccer (n) फुटबॉल खेळ; पायांनेल्लाचो खेळ.

sociable (adj) मनशाळी; इश्ट कसो; सांगाती कसो; चारचौगांतलो.

social (adj) सामाजिक; समाजासंबंदीत; □ चौगांतलो; समाजांत रावपी; समाजाचेमत, जमातीचेमत वावुरपी; समाजाची सेवा करपी; • (n) भौशीक समारंभ; • **socialism** (n) समाजवाद; • **socialist** (adj) समाजवादी (पार्टी); • (n) समाजवादी; • **socialite** (n) वयल्या म्हणटात त्या वर्गांत मिरेवपी; • **socialize** (v) इश्टागतीन, वांगडीपणाचे भावनेन वागप; राश्ट्रिकीकरण करप; कांय भौशीक म्हत्वाचीं आस्थापनां समाजाचे मालकीचीं करप; • **social science** (n) भौशीक वावर (खासा करून समाजांतल्या दुर्बळ घटकांपासत); समाजसेवा; • **society** (n) समाज; □ सांगात; वांगड; □ संस्था; सभा; मंडळ; मेळ; □ समाजांतलो (दुडवांचे नदरेन) आस्तिक वर्ग; • **sociology** (n) समाजविज्ञान.

sock (n) (घो) सॉक; मेय (बूट घालचे पयलीं पांयाक घालपाचो).

socket (n) (घो) सॉकेट; इलॅक्ट्रीक प्लग घालतात तें सॉकेट; □ जातूंत एकादरी वस्त जिस्ताजिस्त बसता अशी पोकळसाण; बुराक; खांप.

soda (n) खार (मडवळखार, पापडखार बी); • **soda-water (n)** पियेवपाचें सोद; सोडा वॉटर.

sofa (n) (घो) सोफा; फाट तेंकोवंक मेळटा अशी लांब मोव बसका.

soft (adj) मोव; नाजूक; बुकबुकीत; □ शांत; □ (आवाज) सकयल्लो; (रंग वा उजवाड) मंद; (उतर) मायेस्त; (वारें, हवा) शितळ; (सभाव) दयाळ; □ सोंसणिकाय नाशिल्लो; • **softly (adv)** थंडसाणेन; • **soft drink (n)** जातूंत आल्कोल ना अशें पियेवचेलें पेय; • **soften (v)** मोव जावप; मोव करप; घटसाण देंवोवप; (मन) दर्वेवप; • **soft-hearted (adj)** दयाळ; उदार; मोवाळ; चुरक्याचो; • **soft-spoken (adj)** थंडसाणेन उलोवपी; गोड उतरांनी मनां जिखपी; • **software (n)** कंप्युटराचें सॉफ्टवॅर; • **softwood (n)** (पिन्यासारकें) मोव लाकूड; • **softy, softie (adj)** सभावान गळगळो; □ अरवळ; फटोवन घेवपी.

soggy (adj) चिप्प भिजिल्लो; भिजून थापो जाल्लो.

soil (n) माती; भुंयेचो वयलो थर; □ (आपलो) देस; (आपली) भूंय; • **(v)** खतावप; म्हेळो करप.

sojourn (n) तत्पुरतो राबितो; • **(v)** तत्पुरतें रावप.

solace (n) प्रसंगावेळावयली बुजवण; थाकाय; सूख; समाधान.

solar (adj) सूर्याचो; सूर्यासंबंदीत; सौर.

solder (v) पासप; सांदोवप; घडसप.

soldier (n) शिपाय; सैनीक; फौजी; □ (अधिकारी सोडून) सैन्यांत काम करपी; • **(v)** सैनीक ह्या नात्यान सेवा दिवप.

sole (adj) एकूच; एकमात्र; □ एकाच मनशासंबंदीत, पंगडासंबंदीत; □ बायल वा घोव नाशिल्ली व्यक्ती; □ पांयाचो तळवो; बुटाचो, जोत्याचो तळ; नांगराचो फाळ, जघल; • **(v)** तळ मारप (बुटाक बी); • **(n)** एक नुस्तें; • **solely (adv)** एकलोच; पुराय; एकमात्र; फकत; निखटो.

solemn (adj) पवित्र; मंगळ; गंभीर; उपचारीक; समारंभाचो; भाराचो; धर्मीक विधींनी केल्लो; • **solemnize (v)** धर्मीक विधींसयत करप; (लग्न बी) समारंभान करप.

solicit (v) अर्जी, मागणें, याचना करप (आधारापासत); कितेंय वांकडें वा कायद्याभायलें करूंक (दुसऱ्यांक) फुडें काडप; (वेश्येन) मार्गार रावन गिरायक सांपडावप; • **solicitor (n)** (घो) सॉलिसिटर; कायद्याचीं कागदांपत्रां तयार करपी; कायद्याचो सल्लो दिवपी; कायद्याचो जाणकार; • **solicitous (adj)** दुसऱ्याकडेन ध्यान दिवपी; अगत्य दाखोवपी; दुसऱ्याचो हुसको करपी; □ उत्सूक; उमळशिकेचो.

solid (adj) द्रव वा वायू न्हय असो; घन; अखंड; भरिल्लो; एकाच जिनसाचो; □ खडेगांठ; घट बुनयादीचेर उबो; □ विस्वासू; बाग घेना असो; जायेसान घटमूट; दुडवांनी ताण; • **(n)** घनपदार्थ; • **solidify (v)** घट करप, जावप; बळिश्ट, एकवटीत जावप; □ घनत्व दिवप; • **solidly (adv)** घटायेन; लागून; सातत्यान; खंड पडूंक दिनासतना.

soliloquy (n) स्वगत; माचयेर आपले

भितर वा एकल्यानूच उलोवप; स्वगतावें बरप; स्वगत-कथन; स्वगत-भाशण; आप-उलोवप.

solitary (adj) एकलो; एकमुरो; सांगाती नाशिल्लो; (लग्न बी जायनासतना) एकलोच रावपी; एकोडो; एकांतवासी; □ सोलतेर; • **solitary confinement (n)** बंदखणींत एकोडो दवरपाची स्यास्त.

solo (n) एकोड्यान सादर करचेली कार्यावळ (संगिताची बी); • **soloist (n)** माचयेर एकलोच वाजोवपी वा गावपी कलाकार.

solstice (n) अयन-दीस; अयनांत; अयनारंभ; वर्साचो व्हड दीस (उजवाड चड काळ आमता अशो) वा न्हान दीस (उजवाड थोडो काळ आमता अशो); उत्तरायण वा दक्षिणायन.

soluble (adj) खिरपाचो; घोळोवपाचो; पातळ करपाचो; विरगळपाचो; विरगळावपाचो; □ (प्रस्न बी) सोडोवपासारको; • **solution (n)** खिरयल्ली पातळ भास; □ प्रस्नाची, कुवाड्याची सोडवण; जाप; उलगडो.

solve (v) सोडोवप; उलगडो करप (प्रस्नाचो बी); अडचण मेकळी करप; □ विरगळावप; खिरोवप; • **solvent (n)** कार्डिल्लें गीण फारीक करपाची ताकत आशिल्लो; □ दुड्याची जापसालदाकी तडीक पावोवक समर्थ आशिल्लो; □ दुसरो जिनस विरगळावपाची ताकत आशिल्लो जिनस; विद्रावक.

sombre (adj) उदास; गंभीर; खंती; चिंतेत; जाचेर चिंतेचें सावट पडलां अशो.

some (adj) इल्लो; कांय; थोडो; □ बरोचसो; जायतो; • **(pron)** कोण एक; कोण तरी; • **somebody (pron)** कोणतरी; • **some day (adv)** केन्ना तरी; एका दिसा; एक दीस; • **somehow (adv)** कशेंय करून; कोणाय भाशेन; • **sometimes (adv)** केन्ना केन्ना.

somersault (n) लाग; उडी; • **(v)** लाग मारप.

somnambulate (v) न्हिदांत चलप.

son (n) पुत्र; पूत; (आवय-बापायचो) चलो, चेडो, झील; • **son-in-law (n)** जांवय.

song (n) पद; गीत; कवीत; गाणें.

sonic (adj) आवाजाच्या न्हारासंबंदीत; शाब्द.

sonnet (n) चवदा ओळींचें गीत; सुनीत.

soon (adv) रोखडोच, बेगीन.

soot (n) काजळ; इंगळ्याचो काळो गोबर.

soothe (v) थंडावप; बुजवण दिवप; शांत करप; दुस्खार, दुखीत फुक मारप.

sop (n) (दूदात बी) भिजयल्लो उंड्या कुडको; □ लाच; (देवचागक) रोंट; त्रास दितल्याक धातारूंक दिल्लीं खावड.

sophisticated (adj) नकली; कत्रीम; चड गिन्यान जोडिल्ल्यान कृत्रीमपणान वागपी; नकली संवसारांत जियेता असो; चड सुधारलेलो; अतीशाणो असो दाखोवपी; □ (यंत्र) आधुनिक तंत्रगिन्यानान केल्ल्यान गूण दिवपी पूण चड नकसूद.

soporific (adj) न्हींद हाडपी; न्हिदसुरो; • **(n)** न्हिदे-वखद.

soppy (adj) ओलो; भिजून चिप्प; थापो जाल्लो.

soprano (n) भुरग्याचो वा बायल मनशेचो वयलो सूर; वइज स्वरांतलें गाणें.

sorcery (n) करणी, फितीस बी; • **sorcerer (n)** करणी, फितीस बी करपी; घाडी.

sordid (adj) हळशिकावणो; हिडीस.

sore (adj) (घाय, मार) दुखता तसलो; सणसण मारतात तसलो; □ दुख्खी; जाका वायट दिसलां असो; □ दूख दिवपी; सणसणपी; • **(n)** दुख्ख दिवपी घडणूक; दूख दिवपी घाय.

sorrow (n) दुख्ख; खंत; खेद; • **sorrowful (adj)** दुख्खान भरिल्लें (काळीज); जड; खंतेस्त.

sorry (adj) दुखेस्त; जाका चुरको दिसता असो; □ दुख्खी; खंती; □ काकूटवाणो; चुरचुरे करिसारको; • **(int)** 'चूक जाली', 'तुमकां सतायतना वायट दिसता' ह्या अर्थाचें उतर.

sort (n) तरा; प्रकार; वर्ग; □ **(v)** वर्गवारी करप; वेगळे काडप; गांठी सोडप.

sortie (n) (सैन्यान) अचकीत दुसऱ्याच्या प्रदेशाचेर घाल्ली धुरी; □ ल्हानशी पासय.

sough (v) (वाऱ्याचें) सोंशेवप; • **(n)** झाडाच्या पानांचो सळसळ.

soul (n) आत्मो; मनीस मेलेउपरांत उरता म्हणटात तो; □ मुखेल जाळवणदार; म्हत्वाचो भाग.

sound (adj) घट; घटमूट; कुमकुमीत; गाड (न्हीद); परिपूर्ण (शिक्षण); हिताचो (सल्लो); □ निर्दोश; जिस्ताजिस्त; ठाकठीक; • **(n)** आवाज; नाद; सूर; • **(v)** किणकिणावप; घणघणावप; वाजोवप; □ (बरें-वायट) मनाक लागप; मनाक दिसप; उच्चारप; • **sound effects (n)** नाटकांत, सिनेमांत संगीत आनी संवाद सोडून हेर आवाज; • **soundproof (adj** आवाज रिगूंक शकना असो; आवाज आडावपी.

soup (n) (घो) सूप; काल्द; सार.

sour (adj) आंबट; विरजल्लें (दूद); बासो, भेळसुटो वास; □ तुसडो, पिरंगणो (मनीस); वायट (अणभव); • **(v)** आंबट करप; आंबटेवप; • **very sour (adj)** आंबट धंवक.

source (n) कारण; मूळ; बीज; जंयच्यान सुरू जाता ती सुवात; सूत्र.

south (n) दक्षिण; • **(adj)** दक्षिणी; दक्षिणेचो; दक्षिणेवटेन तोंड केलां असो; • **south-east (n)** दक्षिण-पूर्व; आग्नेय; • **southern (adj)** दक्षिणेकडलो; दक्षिणेचो; • **south-west (n)** दक्षिण-पश्चिम; नैऋत्य.

souvenir (n) यादस्तीक; निशाणी; स्मरणिका; स्मारिका; उगडासाखातीर दिल्ली वस्त.

sovereign (adj) (राज्य) सार्वभौम; स्वयंशासित; जाचेर दुसऱ्या कोणाचो शेक ना अशें; • **(n)** सम्राट; □ मुखेल; □ (भांगराचें) पोवन; • **sovereignty (n)** प्रभुत्व; सार्वभौमत्व; स्वयंशासित देश.

soviet (n) पंचायत; समिती; परिषद.

sow (v) वोंपप; रोवप; शेतांत किल्लूंक घालप; □ (दुबाव) मनांत रिगोवप; • **(n)** दुकत्र; • **sowing (n)** रोवणी.

soyabean (n) (घो) सोयाबीन; एक धान्य.

sozzled (adj) पियेवन तर्र जाल्लो; बेबदो.

spa (n) खणींतलो झरो (हाचें उदक वखदी आसता); असो झरो फुटता ती सुवात.

space (n) अंतराळ; अंतरिक्ष; अंतर; मेकळी सुवात; थळ; जागो; • वाहनांतली बी बसका; • **(v)** अंतरान वा सुवात सोडून मांडप; मांडटना जागो सोडप; (वेळ बी) वांटप; • **space age (n)** अंतरिक्षयूग; • **space-bar (n)** टायपरायटरांतली अंतर-पट्टी (जी दामतकूच दोन अक्षरां वा उतरांमदीं जागो दवरता); • **spacecraft (n)** चलोवपी आशिल्लें

वा नाशिल्लें अंतरिक्षयान, अवकाशयान; • **spaceship (n)** चलोवपी आशिल्लें अंतरिक्षयान; • **spacious (adj)** आयसपयस; विसकळ; जायती मेकळी सुवात आशिल्लो.

spade (n) खोरें; फावडें; □ काळजाची आकृताय कशी इस्पिकेर छापिल्लें देंटाचें पान; • **spadework (n)** बुनयादी, मुळावो वावर; सुर्वेचो वावर; तयारेचें काम.

spaghetti (n) शेवयांची एक तरा.

span (n) पूल वा आकांच्या दोन कुशींमदलें वा कडामदलें अंतर; □ वेंताचें अंतर; धिकें; □ सुरवात ते अंतमेरेनचो काळ; □ काळमर्यादा; विस्तार; कक्षा; □ बैलांची वा घोड्यांची गाडी; • **(v)** पातळप; वेंतान मेजप.

spangle (n) आंगाच्यार लावचेली सोंबेची पीन; चकचकपी वस्त; तिकली; चमकी.

spaniel (n) सुण्याची एक जात (परतल्ल्या लांब कानांची).

spank (v) कुल्यार थापट मारप; □ धेपा मारीत झरझरीत चलप; • **(n)** कुल्यार मारिल्लें थापट; • **spanking (n)** ख्यास्त म्हणून भुरग्याच्या कुल्यार मारिल्लीं थापटां; • **(adj)** तरतरीत; झरझरीत; सुडसुडीत; झणझणीत ताजें (वारें).

spanner (n) पानो.

spanroof (n) घराच्या पाडसाचीं दोनूय वटांतलीं पालशीं पाखीं.

spar (n) तारवाचो कुवो; शिडकाठी; • **(v)** बॉक्सींग शिकपाखातीर मुठी मारपाची येसाय करप; □ वाद घालप; □ कोंब्याचें दोंक्यांनी झगडप.

spare (adj) अदिकतराचो; आलायतो; जाचो वापर ना असो; बाकी; वरकड; काम ना असो (वेळ); फुरसतीचो; • **(v)** वर्जप; कुशीक काडप; काकूट करप; माफ करप; वाटावप; गरज भागोवप; बाकी दवरप; • **spare part (n)** (गाडयेचो, यंत्राचो बी) सुटो, मेकळो भाग; • **spare time (n)** थार; फुरसत; उसर्पत; • **sparing (adj)** काटकसरी; उणो खर्च करपी; हातचें राखून मोडपी; □ सामको उणो; पावना असो; □ दयाळ; काकूट करपी; उणी ख्यास्त लावपी; • **sparingly (adv)** चुकून (वापरलेलो); खूब थोड्या फावटी; एकादरो.

spark (n) कीट; स्फुल्लिंग; केण; जोगूल; □ कात; □ हारसो कातरपाचो हिरो; • **(v)** किटी उसळप, सोडप.

sparkle (v) चकचकप; झगझगप; फसफसप; बोमाडे येवप; • **(n)** लकलक; झगझग; परजळ; कात; • **sparkling (adj)** फसफसपी; बोमाडे सोडपी; □ चकचकीत; झगझगीत; लकलकीत.

sparrow (n) एक शेवणें; गिरबुजें.

sparse (adj) पातळ शिपडलेलो; दाट वा गच्च न्हय असो; विरळ; दाटायेन नाशिल्लो; भोव थोडो.

spasm (n) मोडणें; स्नायूक आयिल्ली वड; झटको.

spastic (n) (मेंदवाचे पिडेक लागून) जाका मारून येता असो; जाचें आग धरलां असो.

spat (n) किरकोळ झगडें; किजील; वितुश्ट.

spate (n) हुंवार; नेटाचें व्हांवप; झोत; लोट.

spatter (v) उसळावप; शिवरावप; □ अपकीर्त करप.

spatula (n) कायलातो; रुंद चेपटी पट्टी (जिनस धवळपाची; जिनस पातळावन घालपाची).

spawn (n) गाबोळी; लाख; नुस्त्याचीं,

बेबकाचीं बी तांतयां.

speak (v) उतरांनी सांगप; उलोवप; उच्चारप; भाशण दिवप; एकादरी भास उलोवप; • **speaker (n)** वक्तो; भाशण दिवपी; उलोवपी; व्याख्यातो; □ सभापती; □ आवाज वाडोवपी साधन (लाऊडस्पीकर); • **speak out (v)** येवजलां तें धिटायेन सांगप.

spear (n) भालो; • **(v)** भालो रोमप; भाल्यान मारप; • **spearhead (n)** सैन्याची आघाडी; फुडली बट; • **(v)** चळवळीचें बी फुडारपण करप.

spearmint (n) एक वासाची वखदी वनस्पत; वट्टेलांव; पुदिना.

special (adj) आगळो; वेगळो; खाशेलो; विशिश्ट; अपरुपाचो; □ असाधारण; असामान्य; □ राखून दवरलेलो; • **(n)** वर्तमानपत्राचो खास अंक; खाशेली आवृत्ती; □ खाशेली गाडी; □ (हॉटेलांत बी) खाशेलें खाण-जेवण; • **specialist (n)** एकादऱ्या विशयाचो तज्ञ; जाणकार; थारावीक पिडेचो वैज; विशेषज्ञ; • **specialize (v)** जाणकार, तज्ञ जावप; खाशेलें गिन्यान जोडप; • **specially (adv)** मुजरत; खास; खाशेलपणान.

specie (n) रोखड पयशे; नाणीं (नोटी न्हय); मुयेदां; म्होरो.

species (n) एकेच जातींत मोडपी प्राणी, जनावरां; तरा; प्रकार; वर्ग; परी.

specific (adj) अमकोच; जथापथ; जिस्ताजिस्त; • **specification (n)** विवरण; बारिकसाणेसयत टांचण; फोडणिशी; नव्या सोदाचें पेटंट मागतना अर्जासयत दिल्लें विवरण.

specimen (n) तरा; पत; नमुनो; □ तपासणेपासत घेतिल्लो जिनस; □ सवंग (मनीस).

specious (adj) दिसूंक तशातसो; खरो कसो पूण प्रत्यक्षांत नकली, खोटो.

speck (n) बारीक तीळ; तिकली; □ तिबको; खत; □ कित्याचेंय कूस; कुसकूट; कण.

speckle (n) कित्याचेरूय वेगळ्या रंगाच्यो तिकल्यो; धवे कातीर काळो तीळ; तांतयार काळशे तिबके.

spectacle (n) पळोवपासारकी भव्य कार्यावळ, देखावो; व्हड भौशीक दबाजो; • **spectacles (n)** चश्मो; ओक्ल; चाळिशी; • **spectacular (adj)** भव्य; पळोवपासारको; नाट्यपूर्ण; दोळे दिपकावपासारको; • **spectator (n)** पळोवपी; प्रेक्षक (नाटकाचो, खेळाचो बी).

spectre (n) भास; सावळी; □ भूत; पिशाच्च.

spectrum (n) विंगड विंगड रंगान दिसपासारको झोत.

specular (adj) परावर्तक; चकचकीत; हारशासारको नितळ.

speculate (v) तर्क-वितर्क करप; अदमास करप; सट्टो खेळप; • **speculative (adj)** तर्कटी; सट्ट्याचेर आधारिल्लो; अदमासाचो.

speech (n) वाचा; वाणी; भाशण; व्याख्यान; उलोवप; उलयल्लीं उतरां; उलोवपाची तरा; □ बोली; भास; • **speechless (adj)** मोनो; वाचा बसल्या असो; मख्ख; उलोवंक येना असो; उतर फुटना असो.

speed (n) (धो) स्पीड; धांव; गती; वेग; ताकतीक; सडसडीतपण; • **(v)** (गाडी) गतीन, वेगान चलोवप; गती दिवप; बेगीन वचप; • **speedy (adj)** वेळ वगडायनासतना केल्लो; रोखड्यारोखडो; ताकतिकेचो; • **speedometer (n)**

गतीमापक; गाडयेची गती, वेग दाखोवपी सांधन.

spell (v) उतरार्ची अक्षरां क्रमान सांगप; उतर मारकें घडोवप, बरोवप, वाचप; □ अर्थ जावप; • (n) मोहिनी; सावट; कंवटाळ; ओड; जादू; मंत्र; □ पाळी; अंतर; थोडोसो काळ; • **spellbound** (adj) तटास; चकामूर; • **spelling** (n) (घो) स्पेलींग; उतराच्या अक्षरार्ची क्रमान मांडणी.

spend (v) खर्चप; मोडप; पामार करप; (वेळ बी) दिवप; (लक्ष) लावप; (रजा) सोरोवप, घालोवप; (वळ) सोपप; वगडावप; • **spendthrift** (n) विद्दाटी; नश्टाखर्च करपी; खर्चोक; फोल्गी; • **spent** (adj) सोंपिल्लो; खर्वल्लो; खरोल्लो.

sperm (n) दादल्याचें बीज, वीर्य; शुक्राणू.

spew (v) ओकप, थुकप; • (n) ओक.

sphere (n) आटाप; वाटार; मळ; □ गुळो; गोल; वाटकुळी वस्त; गिरो; • **spherical** (adj) अखड वाटकुळो; गोल.

sphinx (n) मनशाचे शीर आनी शिवाची कूड आशिल्लो पुतळो (आदल्या काळार इजिप्शियनांनी घडयल्लो).

spice (n) साबार, ममालो, ममाल्याचो जिनस; □ उमेद, आनंद, रूच बी दिवपी वस्त, गजाल; • (v) ममालो घालून रूच हाडप; आंबट-तीख करप; • **spicy** (adj) ममाल्याचो; आंबट-तीख; रुचीक; □ गोड-मिरमाण लावन सांगिल्ली (खबर).

spider (n) मावली; कापडयो; साळयो; पाकळयो.

spike (n) खर तोंक; धातूची कसलीय खर तोंक आशिल्लो वस्त; लाब खिळो; वागनाखूट; तळाक तोंका मारिल्लो बूट; □ कणशी; • **spiky** (adj) खर तोंकां आशिल्लो; तोंकांचो.

spill (v) चुकून आयदनांतलें ओतप, रकप; □ रगत व्हारप, सांडप; • (n) (उजो पेटोवपाची) कापटी, काडी, कागदाचो तीर बी; • **spill over** (v) ओतो येवन रकप.

spin (v) घुंवप; दांडयेभोंवतणी घुंवत रावप; □ सूत कांतप; गिरगिरावप; कोळिश्टक विणप; जाळें विणप; □ क्रिकेटींत पेल्ल घुंवडावन मारप (स्पीन); • **spin bowler** (n) क्रिकेटींत बोल घुंवडावन बोर्लींग करपी; • **spin-dry** (v) यंत्रांत धुल्ले कपडे सुकोवप; • **spinner** (n) सूत कांतपी.

spinach (n) एक पालेभाजी.

spinal (adj) फाटी-कण्यासंबंदीत; • **spinal column** (n) फाटी-कणो; • **spineless** (adj) कणो नाशिल्लो प्राणी (जिवाणे बी); □ दूबळ; घटमाण नाशिल्लो (मनीस); बाबत (मनीस).

spindle (n) चाकी; टकळी; गाडी; □ आस; वारीस; कणो; अक्ष.

spinster (n) लग्न जावंक नाशिल्ली बायलमनीस; आंकवार; कुमारी.

spiny (adj) कांटयाळ्या आंगाचो; □ त्रास दिवपी; किचकनहीचो.

spiral (adj) कोंडाळ्यान, वेंटाळ्यान गरगरीत वयर सरपी; मळसूदीभाशेन फेऱ्यांचो; नागमोडो; अशीर वाटकुळे इस्कादीभाशेन भोंवाड्याचो; • (n) (दरांत बी जावपी) अचकीत वाड वा उतार; • (v) (दर) अचकीत वाडप, देंवप; □ झरझर वयर सरप, देंवप.

spire (n) घूड, तेमूक; इगर्जेचें बी ऊंचलें तोंक.

spirit (n) आत्मो; जीव; □ मानस; खरो अर्थ; □ धिटाय; उमेद; सर्त; □ भूत; □कडक सोरो; • **spirited** (adj)

उमेदी; धिटायेचो; तरतरीत; जिवसाणीचो; नेटाचो; • **spiritual (adj)** आत्मिक; आध्यात्मिक; धर्मीक; □ पवित्र; • **spiritual retreat (n)** आध्यात्मिक साधना; चिंतन; • **spirituous (adj)** माणें लावपी; घुंवळेचो.

spirt (v) फुटून भायर येवप; घसघसून येवप; उमळून येवप; अकस्मात व्हांवप; धार, झोत कसो उसळप; कारंजें सोडप.

spit (n) (मांस उज्यार भाजपाची) सळी; □ थुकी; निथूं; लाळ; □ खोरेंभर खोलाय; □ भुंयशीर; □ कांय किड्यांचीं तांतयां; • **(v)** सळयेर धरून मांस उज्यार भाजप; □ शिवर पडप; वावझड येवप; □ थुकप; लाळ गळप; □ खेपप; गाळी सवप; गुरगुरप; □ उसळावप; □ थुकपाचो आवाज करप; घोंट घेवप; चुळचुळावप; • **spittle (n)** थुकी; निथूं; गाळ; • **spittoon (n)** पिकदाणी.

spite (n) दुस्वास; तिडक; अखटाय; नसाय; कुण्णटाय; • **(v)** सतावप; दुखोवप; नाका-पुरो करप; त्रास दिवप; • **spiteful (adj)** दुवेसान जळपी; दुश्ट; कपटी; खुनशी; अवदिसा पडिल्लो.

splash (v) कोंडांतलें उदक, रेबो बी अचकीत उसळावप; थेंबे शिवरावप; शिताडो घालप; उदकांत उडी मारप; हातपांय मारप; पावसाचे थेंबे टपटप पडप; □ पत्रकां लोकांक दिसतलीं अशे तरेन वा सुवातेर लावप; खबर मोट्या अक्षरांनी छापप; • **(n)** उदकांत पडिल्ल्याचो, हातपांय मारिल्ल्याचो आवाज; □ उदक, चिखल बी उसळून पडिल्लें खत; • **splash-down (n)** विमान उदकार देंवप, देंवोवप.

splatter (v) थेंबे उसळावप, शिवरावप; शिताडो घालप.

spleen (n) प्लीहा; रगतांत बदल घडोवन हाडपी पोटांत कोठ्या फाटल्यान आशिल्लो विसवो; □ पिरंगण; फडफड; तिडक; हांसो; मजा बी.

splendid (adj) चड सोबीत; अपरूप; झगझगीत; कांतीवंत; तेजवंत; चक्क; • **splendour (n)** झगझग; चकचक; कांत; तेज; अपरुपाय; दबाजो; भव्यताय; म्हयमा.

splint (n) मोडिल्लें हाड बसोवंक उपकरायतात ती सापळी, कापटी, ताब्ल.

splinter (n) कूस; कपचो; • **splinter group (n)** मुखेल पंगडांतल्यान फुटून भायर सरिल्लो गट.

split (v) कातरप; उबो चिरप; कापट्यो करप; फोडप, मोडप, फुटप; • **(n)** फुटाळ; चील; भेतो; • **split second (n)** सेकंडाचो वांटो, अंश.

spoil (v) इबाडप; नश्ट करप; पाड करप; वायट वा निरुपेगी करप; □ (भुरग्याची) वाट लावप; □ भेळशेवप; • **spoils (n)** लुटीचो म्हाल; झुजांत लुटिल्लो जिनस.

spoke (n) गाडयेच्या चक्रांचो मदलो दांडो; आस; वारीस.

spokesman, spokeswoman (n) (दादलो वा बायल) प्रवक्तो; दुसऱ्याचे वतीन उलोवपी; प्रतिनिधी; पडहात.

sponge (n) (घो) स्पंज; उदक ओडून घेवपी, चिटपी वस्त; • **(v)** दुसऱ्याच्या कश्टांचेर जियेवप; • **spongy (adj)** स्पंजाभाशेन उदक ओडपी, चिटपी; मोव.

sponge gourd (n) घोसाळें.

sponsor (v) (कार्यावळीची) अर्थीक जापसालदारकी घेवप; दुडवाचें फाटबळ दिवप; • **(n)** प्रवर्तक; प्रायोजक; आधार, आलाशिरो दिवपी; • **sponsorship (n)** पयशांचें फाटबळ; दुडवांचो आधार.

spontaneous (adj) चेपणाविरयत

आपल्योशयेन केल्ली (गजाल); तत्काळ; आपसूक.

spook (n) भूत; • **spooky** (adj) भुतां आशिल्लीं (सुवात); जंय भुताटकी चलता अशी (सुवात).

spool (n) (घो) स्पूल; चाती; रीळ; (सुताची) गाडी.

spoon (n) कुलेर; चमचो; चिपट; लहान दावल; • **spoonful** (adj) कुलेरभर; • **spoon-feed** (v) कुलेरान खावोवप, लावप; □ मनशाक परावलंबी करप.

sporadic (adj) अदीमदी घडपी; विरळ; मदींच थावून पयत मुरू जावपी; □ (शिडस्त) खंयूय एक मेळपी.

spore (n) बी, बीज (हाचेपासून फुलां दिनाशिल्ली वनस्पत जाता).

sport (n) मौज; खेळ; स्पर्धा; मर्त; □ फकाणा; मस्कऱ्यो; • (v) फकाणा, मस्कऱ्यो करप; खेळप; मौजा करप; • **sportsman** (n) खेळाडो; गडो; जो गडी खेळना अशा; खोशयपासत खेळपी गडो.

spot (n) लहान दाग, तिकली; तिबको; माव; □ जय कितेय घडला अशी सुवात; • (v) दिश्टीक पडप; सोदून काडप; • **on the spot** आसताक; तत्काळ; जयचे थंय; • **spotted** (adj) • तिबक्यांनी भरिल्लो; खतांनी भरिल्लो; • **spotless** (adj) साम्को निवळ; दाग, खत नाशिल्लो; • **spotty** (adj) मावांनी भरिल्लो.

spotlight (n) उजवाडाचो झोत; झोत घालपी दिवो; फोलेर; झगझग.

spouse (n) बायल वा घोव; घरकार वा घरकात्र; पती वा पतीन.

spout (n) पी; तोंडी; आयदनाचें मूख; तोंड; चोंच; झोत; शिळकी; पाल्ल्यासाठवन भुंयेमेरन उदक व्हरपी पायप; • (v) झोतान भायर सरप; शिळकी सोडप, सुटप; □ नाटकांतले भाशेन नाटकी उलोवप.

sprain (v) (हातपांय वी) तिरपप; मुडडप; कस्स जावप; • (n) तिरपणी; मुडडणी; कसकस.

sprawl (v) हातपांय ताणावन बसप, पडप; अस्ताव्यस्त पडप; फतकल मारप; □ (बगेवप) वांकडे तिकडें जावप; गेप कशाकशी वाडप; शागाची कशाकशी वाड जावप; • (n) पसरट, पातळ्ळेली अवस्था.

spray (n) (घो) स्प्रे; शिडशिडो; शिताडो; शिवर; वावझड; शेन; □ चिपनळी; अत्तरदाणी; □ पानांफुलांची मोवीत ताळी; • (v) झडप; शिडशिडप; शिवरप; शेनप; उसळप; शिताडो घालप; • **sprayer** (n) (घो) स्प्रेयर; चिपनळी; फवारो मारपाचो पंप; □ अत्तरदाणी.

spread (v) पसरप; पातळावप; गांवार घालप; • (n) चादर; □ विस्तार; प्रचार; प्रसार.

spree (v) मौजा करप; • (n) मौजा.

sprig (n) पानाची लहान ताळी; आकर; देळो; □ नक्षीकाम.

sprightly (adj) उमेदी; रसरशीत; हांसत्या मुखाचो.

spring (n) (घो) स्प्रींग; □ झरो; वझगे; उदकाची धार; उमळ; □ वसंत रुत; उमेद; □ जुवानपण; □ उडी; उडकी; • (v) वयर उसळप; उमळून येवप.

sprinkle (v) फापडप; शिपडप; शिवर घालप; शिताडो घालप; • (n) शिडशिडो; वावझड; □ प्रक्षोण.

sprint (n) नेटान मारिल्ली धांव; • (v) नेटान धांवप.

sprite (n) परी; यक्ष.

sprocket (n) दांतरो; • **sprocket-wheel** (n) दांतऱ्यांचें चक्र.

sprout (v) आंकरेवप; कोंबेवप; उपजप; कोंब, आंकरी येवप; मोड येवप; देळो फुटप; □ पांखां, शिंगां फुटप; • **(n)** कोंब; आंकूर; मोड.

spruce (adj) गोमटो; टक्क; चक्क न्हेशिल्लो; • **(v)** नेटप; सजप.

spry (adj) कुरकुरीत; चपळ; तरतरीत.

spud (n) खुरपें; • **(v)** खुरप्यान उस्तप.

spume (n) फेण.

spun (adj) कांतिल्लें (लुगट बी).

spunk (n) फस्काची काडी; □ धिटाय; कपशी; □ तिडक; राग; □ कीट.

spur (n) बुटाक लायिल्लें कांतऱ्याचें चक्र (घोड्यार बसले उपरांत हें घोड्याक लायतकूच घोडो धांवंक लागता); □ उर्बा; फाटबळ; स्फूर्त; प्रेरणा; • **on the spur of the moment** अचकीत; त्याच खिणाक; चिंतलेबगर.

spurious (adj) बनावट; नकली; भरस आशिल्लो; फटीचो.

spurn (v) नाका म्हणून कुशीक सारप; अवेरप; खोंटावप; तिरस्कार करप; • **(n)** तिरस्कार; (मारिल्ली) खोंट.

spurt (v) फुटून घसघशीत वयर सरप; धारेन वयर सरप; कारंजें फुटप; (घायांतल्यान) रगत भळभळीत वयर येवप; शिळकी सुटप; • **(n)** नेटाची धार; शिळकी; तुषार.

sputnik (n) (घो) स्पुटनीक; घडयल्लो उपगिरो.

sputter (v) वेगींवेगीं अस्पश्ट उलोवप; निथू उसळावप.

sputum (n) लाळ; थुकी; निथू; कफ.

spy (n) (घो) स्पाय; गुपीतकाडो; गुप्तचर; लस्करी खबरकाडो; हुंगो; गुप्तहेर; तेळपी; • **(v)** गुपीत नदर दवरप; (सरकारी) गुपितांच्या, भानगडींच्या मागार आसप.

squab, squabby (adj) धोदेल; फोपसो.

squabble (v) आड्डून झगडप; झुडून उलोवप; वितंडवाद घालप; बोवाळ करप; • **(n)** झगडें; किजील.

squad (n) पलटण; ल्हान पंगड.

squadron (n) (घो) स्क्वॉड्रन; सैन्याची पलटण; बोटी, विमानांचो ताफो, तांडो.

squalid (adj) हळशिकावणो; बुरसो; म्हेळो; □ उणाक.

squall (n) वाव; ल्हान वादळ; वावटळ; □ किळांच; • **(v)** किळांचप; बोब मारप.

squalor (n) घाण; हळशीक; म्हेळ.

squander (v) दुडवांची बी वाट लावप; उधळप; नश्ट करप; इबाडप; कशाकसो मोडप; • **squanderer (n)** पयशे बी कशाकशे मोडपी; खर्चीक; उधळो.

square (n) चार रस्ते मेळटात ती सुवात; चारूय वटांनी इमारती आशिल्लो चौक; देवळाचो चौक; आंगण; □ काटकोन चौकोन; □ चौकट; □ संख्येचो वर्ग ($9 \times 9 = 9^2$) • **(adj)** चौकोनी; □ वांगडचो; तुळेन बराबरीचो; पुराय; प्रामाणिक; • **(v)** चौकोनी आकार दिवप; □ हिशोब जुळोवप; समजाविशी करप; □ लांच दिवप; • **square deal (n)** योग्य वेव्हार; योग्य वागणूक; • **square meal (n)** पोटभर जेवण; • **square number (n)** वर्गसंख्या; • **square root (n)** वर्गमूळ.

squash (v) चेपून दामून भरप; □ चोंदप; □ बंड मोडप, चिड्डप; □ तोंड बंद करप; □ धुकलून घुसप; गचमुड्डी करप; • **(n)** अर्क; सार; अगळ.

squat (v) उकडयां बसप; कुरंगुटेन बसप; गुठली करून बसप; थपकल मारप; दुसऱ्याचो जागो आडावप.

squawk (v) शेवण्याचें रडप, किरडप; चींचीं केंवकेंव करप; कान किटसारको

आवाज काडप.

squeak (v) (हुंदरान बी) चींचीं करप; • **(n)** किरकीर.

squeal (v) दुकाचें रडप; □ होळम घालप; किळांचप; □ खोशयेन आड्डप.

squeeze (v) दाबप; चेपप; पिळप; आवळप; गच्च भरप; □ रोस काडप; □ सतावप; • **(n)** चेपणी; पिवळणी; • **squeezer (n)** पिळून रोस काडपाचें साधन.

squelch (v) तोंड बंद करप; पिसडप; चेंचप; चिड्डप; मस्तप; माडोवप.

squib (n) फुलवात; आकाशबाण.

squid (n) माणकी (नुस्तें).

squill (n) रानकांदो.

squint (v) तिरशी नदरेन पळोवप; दोळे बारीक करून पळोवप; कडातल्यान पळोवप; • **(n)** तिरशी नदर; कटाक्ष; • **(adj)** तिरकस; तिरसो; • **squint eyed (adj)** नदरेन तिरसो; काणो.

squirm (v) तडफडप; तडफडावप; वळवळप; वळवळावप.

squirrel (n) चानी.

squirt (v) फवारो मारप; फुटून येवप; शिळकी सुटप; • **(n)** धार; शिळकी; फवारो; □ चिपनळी.

stab (v) (सुरो) तोपप; रोंपप; (सुऱ्यान) रोंपप; मारप; घाय करप; • **(n)** घाय; घाव; जखम.

stability (n) थिरपण; थिरसाण, मस्तताय; घटसाण; तगणी; ठायबसणी; थिटाय; • **stabilize (v)** थीर करप; तोल सावाळप; • **stable (adj)** थीर; मस्त; घट; □ चूक नाशिल्लो; टाळूक येनाशिल्लो; हालना असो; धारावणेन पक्को.

stack (n) (तणाचे) गुडवे; कुडे; रास; दाळ; माच.

stadium (n) (घो) स्टेडियम; खेळपाचें मळ (पळयतल्यांपासत बांदिल्ल्या सोप्यांसयत).

staff (n) (घो) स्टाफ; नोकर वर्ग; सेवक वर्ग; शिक्षक वर्ग; कर्मचारी; □ दांडो; लाठी; दंड; रोत; □ आधार; तेंको.

stag (n) हरण; मीर्ग; मेरू; भेकरें; चितळ; □ एकादी कंपनी नवे भाग-भांडवल विकता तें घेवंक धांवपी गिरायक.

stage (n) स्टेज; मंच; रंगमंच; माची; वेदी; □ नाट्यकला; □ अवस्था; आवतिकाय; □ पांवडो; □ थाणें; • **(v)** माचयेर सादर करप.

stagger (v) कडकडप; थरथरप; थतरवितर जावप; गळसणप; कांपप.

stagnant (adj) साठावल्लो; सांचिल्लो; व्हावना असो; कोंड कसो; आडायल्लो; □ सुस्त; थीर; मंद.

staid (adj) गंभीर; मवाळ; थीर.

stain (n) खत; दाग; काळें; □ कलंक; □ भरट; • **(v)** खत, दाग लागप; काळें लागप, लावप; • **stainless (adj)** दाग नाशिल्लो; निर्दोश; निर्मळ; पवित्र; □ कळंबेना असो; पुटां चडनात असो.

stair (n) सपण; पांवडो; मेट;• **staircase (n)** इस्कादं; पाज्ज; □ निसण; शिडी.

stake (n) वंयेचो खूट; थिगी; म्हेड; ट्रकाक कुशीक लायतात तांतलो खूट; आधार; □ पैजेत वा खेळांत लावपाचो दुडू वा वस्त; □ (दुडवांचो) हितसंबंद; • **stakes (n)** जुगारांत लायतात तो दुडू; रेसींत जोडिल्लो दुडू; • **(v)** खुट्याक बांदप; वंय करप.

stale (adj) (खाण-जेवण) बाशें; पाराथें; कांटे जाल्लें; भेळशेल्लें; □ नविदाद न्हय अशी (खबर); □ जाची रसणाय सोंपल्या असो.

stalemate (n) आडावण; वाटबंदी; कोंडी; किजील सुटना अशी अवस्था.

stalk (v)सावदाक मोन्यानी होलमप; □ (जोरी) त्रास दीत सगल्याक पातळप; □ रागान नेटान वचप.

stall (n) (घो) स्टॉल; ल्हान पसरो; तत्पुरतें दुकान; गाडो; □ ल्हान कूड; खण; □ थिएटरांत बरें दिसूंक खाशेल्यो बसका; □ गोठ्यांत वा घोडवळींत त्या त्या जनावराची सुवात; • **(v)** इंजीन बी बंद पडप; □ (बळयां) कळाव लावप; निमित्तां सांगून टाळप; □ वावरांत आडमेळीं हाडप.

stallion (n) बांगर बैल.

stalwart (adj) पराक्रमी; घट थारावणेचो; विस्वासू; निश्ठावान; फाटराखणो; □ घटमूट; धश्टपुश्ट; मानाय कसो; दांडगो; खडेगांठ.

stamen (n) फुलांतलो पुंकेसर.

stamina (n) शक्त; घटसाण; त्राण; सोंसणिकाय.

stammer (v) गागयें, लुडबें, चोंचरें उलोवप.

stamp (n) छाप; म्होर; मुद्रा; □ (टपालाची) तिकेट; (घो) स्टॅम्प; सेल; • **(v)** छाप, म्होर, मुद्रा मारप; तिकेट लावप; □ पांयान दामप, चेपप; □ चुरो करप; □ परिणाम जावप, करप.

stampede (n) आकांतावेळावयली जम्याची धांवाधांव; जम्याचे धांवाधांवीक लागून जाल्ली चिड्डणी, चेपणी, मस्तणी.

stance (n) खेळपाची धाटणी; उबो रावपाची ठेवण; मुद्रा; □ (बुद्दीची वा भावनेची) धारणा.

stand (v) उबो रावप; उबो आसप; बशिल्लो बी उठप; उबो करप; दवरप; □ ऊंच आसप; ऊंचायेचो आसप; • **stand by (v)** तयारेंत (उबो) रावप; वांगडा रावप; • **(n)** (घो) स्टँड; जमचेलो जागो; बसींचो थांबचेलो जागो; बसीचो थांबो; □ जिनस दवरपाची उकती आरमार; वस्तू हुमकळावपाचें तिकटें; दवरणें; □ धारणा; भूमिका; • **standing (adj)** चालंत; सासणाचो; नित्याचो; उबो; उबेट्यांनी आशिल्लो; तयारेंत राविल्लो; थीर; • **(n)** पदवी; योग्यताय; पांवडो; नांवलोकीक; □ वेळ; काळ; □ मान; इज्जत; प्रतिश्ठा; • **standing order (n)** जे मेरेन फाटीं घेना ते मेरेन लागू आशिल्लो हुकूम, सुचोवणी.

standard (n) निशाण; बावटो; पताक; घुडी; □ दर्जो; पांवडो; पत; आदर्श; □ वर्ग; यत्ता; □ धिगी; खांबो; □ माप; प्रमाण; • **standard-bearer (n)** बावटो, घुडी धरपी; चळवळींत फुडें आसपी; मुखेली; • **standardize (v)** पतीप्रमाण करप; प्रमाणाक धरून करप; • **standard of living (n)** जीवनमान; जिविताचो पांवडो; • **standard time (n)** प्रमाण वेळ.

standpoint (n) एकादरे गजालीकडेन पळोवपाची नदर; दृश्टीकोन.

standstill (n) हालना-धोलना अशी अवस्था; स्तब्धताय; खंड.

stannary (n) कांश्याची आनी शिश्याची खण.

stanza (n) कडवें; श्लोक.

staple (n) कागदांपत्रां एकठावपाचो गांच; □ म्हत्वाचो भाग, घटक; • चड म्हत्वाचो; मुखेल; □ चड पिकपी; • **(v)** गांचावप; • **stapler (n)** (घो) स्टेपलर; कागदां-पत्रां गांचावपाचें साधन.

star (n) नखेत्र; नक्षत्र; रातीवेळार मळबांत लकलकपी, लुकलुकपी चांदणी; □ मानमरातबा वेळार भेट म्हणून दितात ती

नखेत्राभाशेन वस्त; □ नांवलोकीक जोडिल्लो मनीस; नांवाजतो खेळगडो; कलाकार; • (v) नखेत्रां लावन भोवमान करप; सिनेमा, नाटकांत मुखेल कलाकार म्हणून लकलकप; • **stars** (n) ग्रहमान; गिरे; नशीब; दैव.

starch (n) धान्यांतलें, बटाटांतलें बी सत्व; खळ; तत्र; □ वस्त्रां धुयले उपरांत कडकसाण येवची म्हणून वापरतात ती कांजी; • (v) वस्त्र कांजींत, तत्रांत बी काडप; • **starchy** (adj) पिठूळ.

stardom (n) कलाकाराचो संवसार; कलाकारांचें विश्व; कलेच्या वा खेळामळार जोडिल्लो नांवलोकीक.

stare (v) तीख नदरेन पळोवप; दोळे वाटारून पळोवप; टुकटुक पळयत रावप; करा करप; • (n) तीख नदर; करा.

star-gazer (n) नक्षत्रविद्येचो अभ्यासक; □ सपनातल्या सवसारांत जियेवपी; • **starlight** (n) नक्षत्राचो उजवाड; चान्न्याची पसय.

stark (adj) कडक; कुटकुटीत; टणक; □ उकतो; फोडणिशेची गरज ना असो; • **stark naked** (adj) सामको नागडो; बिगळो; आगार एकूय वस्त्र ना असो.

starling (n) चिवचिव करपी एक लहान काळें शेवणें.

starry (adj) नखेत्राभाशेन चकचकपी; नखेत्रांनी भरिल्लें.

start (v) (वावर) सुरू करप; आरंभ करप; सुरवात करप; (प्रवासाक) भायर सरप; (यंत्र) चालू करप; (नवें) घडप; स्थापप; □ भयान कच्च जावप; अजापान आंग काडप; • (n) आरंभ; सुरवात; अजाप; धक्को; • **starter** (n) रेसींत धांवपी घोडो; धांवपाचे सर्तींत वांटो घेवपी मनीस; रेसीक, शर्यतीक बावटो दाखोवपी; □ (घो) स्टार्टर; यंत्र सुरू करपाचें साधन.

startle (v) अजापाचो धसको, धक्को दिवप; भेश्टावप; □ खप्प जावप; कच्च जावप; चकासूर जावप.

starvation (n) उपास; उपासाचे वळवळे; भुकेच्यो वडी; • **starvation death** (n) उपास घडिल्ल्यान आयिल्लें मरण; • **starve** (v) भुकेन वळवळप, वळवळावप; तळमळप, तळमळावप; मरप, मारप; □ सामको गरजेक पडप; अकलेक येवप.

state (n) अवस्था; आवतिकाय; दशा; परिस्थिती; भेस; □ देस; राज्य; प्रांत; □ राज्यसमथा; □ सरकारी मानभोवमान; हुद्दो; थाट; वैभव; • (v) मांडप; स्पश्टपणान सांगप; विधान करप; • **statecraft** (n) राजकारण; राजकारण कला; कूटनीत; • **stateless** (adj) जाका देश, नागरिकत्व ना असो; • **stately** (adj) मानभोवमानाचो, सरकारी दबाज्याचो (येवकार, पावणार); • **statement** (n) निवेदन; विधान; स्पश्ट म्हणणें, सांगणें; • **statesman** (n) राजनितिज्ञ; राजकारणी; मुत्सद्दी.

static (adj) थीर; घट उबो; हालना-धोलना असो; व्हावना असो.

station (n) (घो) स्टेशन; वाहनांचें रावचेलें थाणें; रेल्वेचें स्टेशन; □ पोलिसांचें स्टेशन; थाणें; मेट; □ वावराची सुवात; ठिकाणें; ठिकाण; • (v) वावराचे सुवातेर तयारेन रावप; थाणें करप; • **stationary** (adj) थीर; एकेच सुवातेर उबो; बदलना असो.

stationer (n) बरोवचेलें सायित्य विकपी; • **stationery** (n) बरोवचेलें सायित्य; लेखन सायित्य.

statistics (n) आंकड्यांतल्यान म्हायती दिवपाचें शास्त्र; आंकड्यांनी मांडिल्ली

परिस्थिती; आंकडेवारी.

statue (n) लाकूड, फातर वा धातूपासून केल्लो पुतळो.

stature (n) जायेस; आंगावो; आंगलोट; ऊंचाय; व्हडाय; □ नांवलोकीक; समाजमान्यताय; व्हडवीक; म्हत्व.

status (n) समाजांतलें मनशाचें स्थान, पदवी, पांवडो, हुद्दो, व्हडवीक.

statute (n) पास जाल्लो, बरयल्लो कायदो; घटना; पास जाल्ले कायदे, नेम, थराव; • **statutory (adj)** कायद्यान घडयल्ली; कायदेशीर; कायद्याचे आयटींत काम करपी (समिती).

staunch (adj) खमको; पक्को; □ विस्वासू; प्रामाणिक; • **(v)** (घायांतल्यान) रगत व्हांवता तें थांबोवप.

stave (n) संगिताचीं नोटेशनां बरयतात त्यो पांच समांतर ओळी आनी तांतली सुवात; □ बल्लाचें बाग आशिल्लें फळें; □ रोत; दांडूल; • **(v)** बोंथो घालप; निवारण करप.

stay (v) (आसा थंय, तसो) रावप; राबितो करप; रावतिका करप; तगून धरप; आसा ती परिस्थिती दवरप; • **(n)** (घो) स्टे; न्यायालयान दिल्ली स्थगिती; □ धिगी; आधार; रावतिका; पेणें; रावतिकेची सुवात.

steadfast (adj) थीर; घट; बदलना असो; प्रामाणिक; (उतराक बी) धरून रावपी.

steady (adj) घट बसयल्लो, लायिल्लो; घट; थीर; लडलडना असो.

steak (n) नुसतें वा मांसाचो कुडको.

steal (v) चोरप; चोरी करप; फारावप; सुतलावप; चोरयां नदर मारप; □ मोन्यानी कूस मारप; • **stealthy (adj)** चोरयां केल्लो; जागमाग, वास लागूंक दिनासतना तडीक व्हेल्लो; चोरवाटेचो.

steam (n) वाफ; ऊब; • **(v)** वाफेर चलप; वाफेर शिजोवप; • **steamer (n)** वाफेर चलपी इंजिनाची बोट; आगबोट; • **steam-engine (n)** वाफेर चलपी इंजीन.

steel (n) तिखें; पानवळ दिल्लें लोखण; • **(v)** निबर; घट जावप; • **steelworks (n)** तिखें करपाचो कारखानो; • **steelyard (n)** जडगुळो सामान, लोखण बी जोखचेलो कांटो (खाशेली तागडी).

steep (adj) (चडटी, देंवती) उबी; • **(v)** उदकांत भिजत दवरप; बुडोवन काडप.

steeple (n) कळस; घुमट; घूड; ऊंचेलें तेंमूक (इगर्जेचें बी).

steer (v) वाहन योग्य दिशेन चलोवप; येरें धरप; □ कार्यावळ रितीन आटापप; • **(n)** मांसापासत पोशिल्लो बैल; • **steering-wheel (n)** (घो) स्टियरींग; गीय; गी; सुकाणू; येरें; • **steering committee (n)** सुकाणें-समिती; कार्यावळ यथायोग्य चलोवपी समिती.

stele (n) थड्यावयली कोरांतिल्ली यादस्तीक-फातर.

stellar (adj) नक्षत्रासंबंदीत.

stem (n) देंट (पानाचो, फुलाचो, फळाचो); झाडाचें कांड; तारवाचो फुडलो भाग; □ शब्दमूळ; • **(v)** आडावप; बांद घालप; आळाबंदा हाडप; व्हांवता तें थांबोवप.

stench (n) घाण; कुसट्टाण.

stencil (n) (घो) स्टॅन्सील; प्रती छापचेली एक तरा.

stenography (n) लघुलेखन कला; पयलीं आवाजावयल्यान चित्रां बरोवन उपरांत उतरांनी बरोवपाची कला.

step (n) पावल; पावलभर वाट; पावलाचो आवाज; चाल; पावली; चलपाचो थाट; □ पांवडो; सपण; □ उपाय; • **(prefix)**

आवय-बापायच्या दुसऱ्या लग्नासंबंदीत; सावत्र, सवत (आवय, भाव वी); • (v) पावल घालप; पावली मारप; चलप; • step-ladder (n) सपणांची निसण; • steps (n) निसण; शिडी; □ सपणां; • stepping stone (n) व्हाळ वी बालाडुक दवरतात तांतलो एक फातर; □ ऊंच चडुंक, पावूंक उपकारापाचें साधन.

stereophonic (adj) वेगळेवेगळेकडल्यान आवाज येत असो परिणाम घडोवपी यंत्रणा; • stereoscope (n) एकेच तरेचे दोन फोटे एकठाय पळोवपाचें उपकरण जांतल्यान पुराय भरिल्लें (घन) चित्र दिसता; • stereotype (n) मुळ्या टायपाची जुळणी करून घडयल्ले पान; • stereotyped (adj) एकाच साच्यांतली; एकेच तरेचो; तोच तोच; जातूत बदल जायना असो.

sterile (adj) पडग; बेजाग; बाज; नापीक; □ जंतूविरयत, निर्जंतूक; • sterilize (v) जंतूविरयत करप.

sterling (n) ब्रिटीश चलन; • (adj) सुलाखी; अस्सल; चोख; शुद्ध; निर्मळ; अपरूप.

stern (adj) कडक; खर; कठोर; गंभिर; □ शिस्तीचो; • (n) तारवाचो फाटली वट.

sternum (n) हड्ड्याचें उबे हाड.

stertorous (adj) मोट्यान घोरपी.

stet (v) मुळात बरयला तशेंच दवरप; (प्रुफात) सुदारपाच्यो कुरवो केल्यात त्यो उखेलप.

stethoscope (n) (घो) स्टेथस्कोप; छाती तपासपाचें वैजाचें साधन.

stevedore (n) तारवांचो म्हाल चडोवपाचो वा देंवोवपाचो वेवसाय करपी.

stew (v) मंद उज्यार शिजोवप; • (n) मंद उज्यार शिजयल्लो जिनस.

steward (n) विमानांत, बोटींत प्रवाशांक जाय-नाका तें पळोवपी सेवेकार; शेता-भाटाचेर नदर दवरूंक नेमिल्लो कारभारी; कार्यावळीचो सुत्रधार.

stick (v) तोपप; रोमप; दसप; दसोवप; पांकोवप; खोवप; • (n) बडी; वेत; रोत; शिट्टी; (फस्काची वी) काडी; • sticker (n) (घो) स्टिकर; दसपी लेबल, चित्र वी; • sticky (adj) चिकचिकीत; पांकट; दसपी; □ कठीण.

stickler (n) बारीक गजालींपासत तागून धरपी; किरकोळ गजालींचेर आडावन धरपी; अमके जावकूच जाय म्हणून आग्रो धरपी.

stiff (adj) कडक; टणक; घट्ट; सोपेपणी बागवना असो; दोडना असो; □ कठीण; बदना असो; • stiffen (v) अदीक कडक, घट्ट जावप; • stiffness (n) कडकसाण; टणकसाण.

stifle (v) तोंडांत, नाकांत कितेय चोंदिल्ल्यान स्वास घेवप कठीण जावप; घुसमटप; घुसमटावप; आवाज बंद करप; आवाज बंद जावप.

stigma (n) नांवाक लागिल्लें खत; काळे; कलंक; □ जल्माची माव, तीळ वी; □ पिडेक लागून जाल्ली माव; □ आंगार मारिल्ली मुद्रा; दित्ले दाग; बूट.

stile (n) वणटीर वा दुगार चडपाचीं सपणां.

still (adj) थंड; किण्ण; स्तब्ध; आसा थंयच आशिल्लो; हालचालीविरयत उबो; □ (पियेवचेलें) फसफसना अशें; • (n) किण्ण; किण्णताय; थंड वातावरण; □ सोऱ्याची भाटी; □ फिल्मांतलो फोटो; • (adv) अजुनूय; आनिकूय; तरिकूय; तरी पूण; तरी लेगीत; आतां मेरेन; ते मेरेन; • (v) बंद करप; मना करप; शांत करप.

stilts (n) खडावो लायिल्ले दांडे (अशा

दोन दांड्यांचेर उबो रावन मनीस चलता, नाचता बी); घोड्या-दौंके.

stimulant (adj) उर्बा, तरतरी, हुशारी हाडपी वखद वा कितेंय पियेवचेलें (च्या, काफी बी); उत्तेजक; • **stimulate (v)** उर्बा, तरतरी, हुशारी हाडप; • **stimulus (n)** उर्बा दिवपी वस्त, गजाल; उद्दीपक; □ उर्बा; स्फूर्त.

sting (n) कूस; (गांजिलान बी) कूस लायिल्ल्यान आयिल्ली कळ, वड, वेग; □ खातकुतली; • **(v)** कूस लावप; कळ, वेग मारप; □ खातकुतली लागप; • **stingy (adj)** सुवार्थी; हिमटो; चामटो; किरपण; उणाक.

stink (n) घाण; कुसट्टाण; पोंवसुटाण; सोंसूंक जायना असो दुर्गंध; • **(v)** घाण, कुसट्टाण येवप; □ पोंवशेवप.

stint (v) दितना हिमटेपण करप; हात ओडटो घेवप; जाय ताचेपरस उणें घेवप; • **(n)** मर्यादा; वांट्यापुरतें काम; • **without stint (adv)** हात सोडून; उकत्या मनान.

stipend (n) (नोकरी करतल्याक) खर्चापुरतो पगार; शिकतल्याक भत्तो; अभ्यासवेतन.

stipple (v) तिबके मारून चित्र काडप.

stipulate (v) कांय अटींचेर मान्य करप; कबलातीक धरून मांडणी करप; • **stipulation (n)** कबलातींतली अट.

stir (v) खिरोवप; घोळोवप; हालप; हालोवप; हालचाल करप; उळउळप; उचांबळ जावप, करप; जागोवप; धवळप; जागृत करप, जावप; • **(n)** बोवाळ, गडबड, गोंदळ; भौशीक उमळशीक.

stirrup (n) घोड्यार बसले उपरांत पावल घालपाची खोवणी.

stitch (n) शिवणीचो पोंत, टांको; शिवणीची तरा; □ धांवतना कुशीक आयिल्ली कळ; • **(v)** शिंवप; पोंत, टांको मारप; टांको पडप; दोरो, धागो घालप.

stock (n) (घो) स्टॉक; व्यापाऱ्याचे गांठीक आशिल्लो म्हाल; भांडवल; सांठो; पुरमेंत; पुरवठो; □ रुखाचें कांड; □ तुबकाचो, आर्माचो दस्तो; □ चाबकाची मूठ; □ घराणें, कूळ; □ गोरवां; □ सरकाराक वा कंपनीक कळंतरान दिल्लो दुडू; • **(adj)** (जबाब) सदचोच; तयार; • **(v)** सांठो करप; विकचेपासत म्हाल सांठ्यांत दवरप; • **stocks (n)** बोट बांदतना वा सरी करतना जिचेर दवरतात ती ऊंचाट; □ आदल्या काळा ख्यास्त म्हणून गुन्यावगाराक बांदताले तें तिकटें; • **stockbroker (n)** रोख्यांचो दलाल; शॅर-दलाल; • **stock exchange (n)** रोखे, शॅर खरेदी-विक्री करचेलें ठिकाण; रोखे-बाजार; • **stockist (n)** म्हालाचो सांठो दवरूंक नेमिल्ली व्यक्ती; दुकान; • **stockpile (v)** झूज वा दुकळाचो अदमास घेवन म्हाल सांठोवन दवरप; • **stock-taking (n)** सांठ्याक आशिल्ल्या म्हालाची मेजणी.

stockade (n) म्हेडी पुरून केल्ली गडगंज वंय.

stocking (n) धोंपरामेरेन पावपी मेय.

stocky (adj) गिड्डो; आंगान मोटो; गाडगुलांव.

stodgy (adj) (अन्न) जिरवणेक कठीण अशें; □ जड, सुस्त; रुक्ष; □ वाज हाडपी; कंटाळवाणें.

stoic (n) सूख दुख्ख समान मानपी व्यक्ती; • **stoicism (n)** सूख दुख्ख समान मानपी तत्त्वज्ञान.

stoke (v) लाकडां आनी कोळसो घालून खोर्नांत उजो सारप.

stole (n) ओल; रसमी गळपटो; (पाद्री

धर्मीक कार्यावळीं वेळार घालतात तो).

stolid (adj) सुस्त; जड; थंड; उमळशीक नाशिल्लो.

stomach (n) पोट; कोठो; □ भूक; वानसा; • **(v)** सोंसप; गिळप; भकप; खावप; • **stomach-ache (n)** पोटखाणें.

stomp (v) भुंयेर भार घालून चलप; दणदण करून चलप.

stone (n) फातर; गुंडो; खडप; तळप; पाशाण; □ (वांटपाची) फातर; (यादस्तिकाचो) चिरो; (मोलादीक) खडो; (धोंडयाऱ्याचे तकलेंतलो) फातर; □ मुत्राशयांतलो फातर; □ आंब्याची बी कोय; • **(v)** फातरांनी मारप; फातरावप; फातर शेवटप; • **small stone (n)** फातुल्ली; • **stone age (n)** मनीस फातरांचीं आवतां वापरतालो तें यूग; पाशाण-यूग; • **stone-blind (adj)** सामको आंधळो; • **stone-cold (adj)** थंड किरांव; पाशाणाभशेन मख्ख; • **stone-cutter (n)** कोंकिर; फातरफोडो; फातर कोरांतपी; • **stonemason (n)** गंवडी; • **stone-pit (n)** चिरेखण; • **stoneware (n)** फातरांचीं पातळ आयदनां; • **stony (adj)** खडपी; तळपी; पाशाणी; □ मख्ख; भितल्ले गाठीचो; निर्दय; फातरा-काळजाचो; • **stony-broke (adj)** खाकनवाळ; कफल्लक.

stooge (n) लेंबडो; पाळवो; वरिष्ठाचें कसलेंय काम करपी; विनोदी पात्राचो सांगाती (हाची माचयेर फकाणा करून विनोदी पात्र लोकांक हांसयता).

stool (n) (घो) स्टूल; तामरेत; चवाय; फाट नाशिल्ली बसका; □ पायखिळो; संडास; □ गू; विश्ठा.

stoop (v) ओणोव घेवप; पोंग घेवप; बाग घेवप; □ नितीचे नदरेन खाला देंवप; उणाक काम करप; • **(n)** पोंग; ओणोव; बाग.

stop (v) थांबप; थांबोवप; बंद करप; बंद जावप; मना करप; रावप; एका जाग्यार रावप; वसती करप; आडावप; (व्हांवता तें) बंद करप; (तोंड) धांपप; • **(n)** पेणें; थांबो; विसव; विराम; • **stopcork (n)** उदकाची तोटी; पी; • **stopgap (adj)** गरजेपुरतो; तत्पुरतो; • **stopover (n)** प्रवासांत मर्दी केल्लें पेणें; विसवापासत केल्ली वसती; • **stoppage (n)** मनाय; बंदी; खंड; खळणी; थांबणी; आडमेळें; संप; • **stopper (n)** गुड्डी; शिशाचें धांपणें; • **stop-press (n)** दिसाळें छापूंक वतना निमाण्या वेळार आयिल्ली खबर.

storage (n) म्हाल दवरपाची सुवात; कोठी; आयदन; □ कुणगी; आगर; • **store (v)** जिनस फुडाराखातीर दवरप; सांठो करप; पुरुमेत करप; • **(n)** कोठयेंत दवरलेलो जिनस; सांठो; कोठी; □ दिसपड्टे गरजेचे जिनस जंय मेळटात अशें दुकान; मांड; पसरो; • **storehouse, store-room (n)** कोठी.

storey (n) इमारतीचो मजलो, माळो.

stork (n) एक पक्षी; बकें; बळार.

storm (n) वादळ; वाव; मोड; □ उफाळो; उद्रेक; • **(v)** खुबप; रागान आड्डप; रागान प्रवेश करप; हल्लो करून ताब्यांत घेवप; • **stormy (adj)** वादळ कसो; मोड कसो.

story (n) काणी; कथा; प्रसंग; प्रसंगाचें वर्णन.

stout (adj) आंगान मोटो; काळजान घट; • **(n)** बीयरीचो एक प्रकार.

stove (n) (घो) स्टोव.

stow (v) गच्च भरप; घट्ट बेरें कवळप; □ बोटीर चडोवप.

stowaway (n) तिकेट काडिनासतना चोरून विमान वा बोटींतल्यान प्रवास करपी.

straggle (v) कशाकशें पातळप; वाडप (खाड, वाल बी); फाटीं उरप, पडप; चाल मंदावप.

straight (adj) जाका बाग ना असो; नीट; सरळ; उबो; खूट कसो; □ उजू; प्रामाणिक; सरळ; □ जिस्ताजिस्त; • **(adv)** नीट; सरळ; • **straighten (v)** नीट, सरळ करप, जावप; • **straight forward (adj)** सभावान सरळ; भीड-भाडो बाळगिना असो; दाखय-लिपय करिना असो; तोंडार उलोवपी; मनमेकळो.

strain (v) चड ताणप; पेलप; प्रयत्न करप; तकस घेवप; जाता तितलें बळ वापरप; □ गाळप; □ हिसपाभायर वापर करून इबाडप; • **(n)** ताण वा भार पडिल्ली अवस्था; □ बरोवपाची वा उलोवपाची रीत; □ सभावगुणांतली वज.

strait (adj) अशीर; • **straits (n)** दोन दर्यांमदलो उदकाचो पाट (कुशींक भूंय आशिल्लो); सामुद्रधुनी; □ दुडवांची अडचण, गरज.

strand (n) दर्याची देग, धड, कड; □ दोरी; दोरयेचो पोड; • **(v)** (तारूं) तडीक लागप; तडीक मुंगरप; □ (दुसऱ्या देशांत बी आधाराविणें) अडून उरप.

strange (adj) अनवळखी; परकी; आपलो न्हय असो; □ विचित्र; आगळो; नवखो; आथवो; • **stranger (n)** अनवळखी; परकी; तिरायत; भायलो.

strangle (v) गोमटी; गची अंदून, आंवळून, मुड्डून मारप; पिवळप; कोयणी, गोळ घालप; घुसमटावप.

strangulate (v) अंदून, दामून रगत घोळचेलें बंद करप; • **strangulation (n)** गची अंदिल्ल्यान आयिल्लें मरण; गचयेची अंदणी; घुसमटमार.

strap (n) लुगटाचो वा चामड्याचो पटो (कमराचो, घडयाळीचो, कॅमेऱ्याचो बी); • **(v)** पट्यान बांदप; पट्यान मारप; पटो आंवळप; • **straphanger (n)** गाडयेंत, बसींत हुमकळट्या पट्याक धरून उब्यांनी प्रवास करपी.

stratagem (n) क्लुप्ती; कळाशी; हिकमत; आडगां-नाडगां; नाडबुद्दर.

stratum (n) पांवडो; स्तर; थर.

straw (n) करड; सुकें तण (भातयेण बी); □ तणाची काडी; □ पातळ जिनस तोंडांत ओडून धेवचेली पोकळ काडी (स्ट्रॉ); □ मोल नाशिल्ली वस्त; काडयेमोलाची वस्त.

strawberry (n) (घो) स्ट्रॉबॅरी; एक ल्हान तांबडें रसाळ फळ.

stray (v) वाट चुकप; आड वाटेन वचप; आडमार्गाक लागप; पारपोळ कसो भोंवप; रस्ताद फिरप; • **(adj)** पारपोळ (सुणें); पारपोळ (मनीस); □ शेणिल्लो; सांडिल्लो; आडमार्गाक लागिल्लो; रस्ताद; □ (चिंतना) अदीं-मदीं येवपी; अवांतर; खिणयाळो.

streak (n) सडो; गांज; रेगटी; पाट; □ सया; प्रवृत्ती; लक्षण; □ उजवाडाचो बारीक झोत; रंगीत पटो; • **(v)** नेटान धांवप; गतीन वचप.

stream (n) व्हाळ; व्हाळी; झरो; उदकाचो लोट; झोत; प्रवाह; व्हांवती; □ शिकतल्या भुरग्यांचे विंगड-विंगड स्रोत, पाट (जशे कला, शास्त्र, व्यापार बी); • **(v)** व्हांवप; केंस वाऱ्यार उबप.

streamline (v) वेगान वतना हवा वा उदकाचो झोत बादचोना अशें वाहन घडप, तयार करप; कितेंय सामकें सादें, मांडणेचें

आनी किटकीट दिवचेंना अशें करप.

street (n) (गांवांतलो वा शारांतलो) अशीर रस्तो आनी कडेचीं घरां; मार्ग (म्हामार्ग न्हय).

strength (n) घटसाण; घटाय; तांक; त्राण; बळ; शक्त; □ संख्या; आंकडो; • **strengthen (v)** घट, खर करप.

strenuous (adj) चड श्रम करचे पडटात असो (वावर); कश्टाचो; ताण घालपी; पुरो करपी.

stress (n) ताण; दबाव; दाब; नेट; भर; भार; • **(v)** नेट दिवप; भर दिवप; भार घालप; म्हत्व दिवप.

stretch (v) ताणून, ओडून लांब वा रुंद करप; चड ताणप; लांबप; विस्तारप; • **(n)** रस्त्याचो बी लागून कुडको; लागून वेळ.

stretcher (n) (घो) स्ट्रेचर; पिडेस्तांक न्हिदावन व्हरपाची ताटी.

strew (v) शिपडप; फापडप; वोंपप.

stricken (adj) धरून पडिल्लो; अडचणीक लागून अडून उरिल्लो.

strict (adj) कडक; खर; शिस्तीचो; □ जिस्त; जिस्ताजिस्त; सारको; □ पळवाट ना असो; • **strictly (adv)** सामको; पुरायेन; कडकसाणीन; खऱ्यानशीं.

stride (v) दांगां, धेपां घालीत चलप; • **(n)** दांग; धेंप; चलपाचो नेट.

strident (adj) (आवाज) कान किटसारको; किनरो.

strife (n) वितुश्ट; किजील; वांकडेपण; झगडें.

strike (v) बडोवप; पेटप; मारप; हाणप; □ आदळप; आपटप; □ घुरी घालप; हल्लो करप; □ काम बंद दवरप; संपार वचप; □ (खणींत मोलादीक म्हाल) सापडप; □ आवाज करप, काडप; परिणाम करप; □ नाणें, म्होर, वस्त घडोवप; □ थारावीक वाटेन वचप; □ (फस्काची काडी) मारप; • **(n)** धपको; हल्लो; □ संप; □ अकस्मात सांपडलेली वस्त; • **striker (n)** संपार गेल्लो कामगार; □ फुटबॉलांतलो मुखावयलो खेळगडो; □ मारपी; बडोवपी; □ कॅरम खेळांतलो 'स्ट्रायकर'; • **striking (adj)** अजापाचो; आगळो; लक्षांत भरसारको; मनार परिणाम करपी; ओडलायणो.

string (n) घट दोर; बांदपाची कसलीय दोरी, पास, सुतली बी; □ वाद्याची तार; सरी; □ माळ; □ रस्त; • **(v)** गुथप; दोरी ताणप; दोरयेर हुमकळप, हुमकळावप.

stringent (adj) (नेम, कायदो) आसा तसो पाळपासारको; □ पयशें बी नाशिल्ल्यान जतनाय घेसारको; □ कडक; खर.

strip (v) वयलो थर, पातें, साल काडप; □ आंगावयलें काडप; नागडो करप; □ रितो करप; □ दिल्लें बिरूद, पदवी निखळावप; □ लुबाडप; • **(n)** लांब पाट; पटो; कागदाचो, लुगटाचो तिरांटो; □ धांव-पट्टी.

stripe (n) रंगाचो पाट, पटो.

stripling (n) आडसाटो तरणाटो.

strive (v) प्रयत्न करप; तकस घेवप; तकालस काडप; कितेंय प्राप्त करूंक झुजप.

stroke (n) घाव; धपको; आघात; मार; फटको; □ अचकीत घडिल्ली खबर; □ घांटीचो टण्ण आवाज; □ पेन पेन्सिलीची रेगटी; रिस्क; ब्रशाचो फटकारो; बॅटाचो बॉलार धपको; □ प्रयत्न, करणी; □ **(v)** सांसपप; थापटप; एकेच दिशेन थापटून शांत करप वा उचांबळावप.

stroll (v) पासय मारप; भोंवप; पासयेक वचप; फिरूंक वचप; • **(n)** पासय.

strong (adj) घट; घटमूट; निबर; कुमकुमीत; बळिश्ट; धीर; □ (रंग) गाड; दोळ्यांत भरसारको; □ (च्या) दाट; □

गडगंज; • **stronghold (n)** किल्लो; कोट; □ घटसाण दिवपी सुवात; राखणे-सुवात; • **strong drink (n)** लागता तसलें पेय, पिवन; सोरो; मद्य; • **strong-minded (adj)** थीर; निग्रही; मनान घट; • **strong point (n)** जमेची बाजू; घटाय दिवपी गूण; • **strong-room (n)** दुड्डू, मोलादीक वस्तू दवरपाची खाशेली कूड (बँकेची बी).

strop (n) वाखराक धार लावपाचो चामड्याचो पटो.

structural (adj) बांदावळीसंबंदीत; • **structure (n)** (घराची बी) बांदावळ; रचणूक; □ सांगाडो; धोलारो.

struggle (v) प्रयत्न करप; धडपडप; तकस घेवप; झुजप; कश्ट काडप; • **(n)** तकालस; धडपड; लडाय; संघर्श; संगर.

strut (v) हड्डें फुडें काडून चलप; तंवकत चलप; • **(n)** धिगी.

stub (n) सिगाराचें पोंतेर; लाप्साचो निमाणचो कुडको; □ चेक वा पावतेची थळ-प्रत; • **(v)** पांयाचो आखाणो आपटून दुखप; □ सिगाराचें पोंत चिड्डून पालोवप.

stubble (n) लुवणे उपरांत शेतांत उरता ते तणाचे खूट; □ खूट कशें खाड.

stubborn (adj) हटी; आपल्या वाद्याचो.

stud (n) खमसाचो बुतांव; तोपऱ्या-खिळो.

student (n) विद्यार्थी; शाळा, कॉलेज वा विद्यापिठाचो विद्यार्थी; एकाद्ऱ्या विशयाचो अभ्यास करपी; अभ्यासक.

studio (n) (घो) स्टुडिओ; चित्रसाळ; शिल्पी; चित्रकार; फोटोग्राफर हांची कामाची सुवात; □ आकाशवाणी, दूरदर्शन, चलचित्र स्टुडिओ; कलामंदिर.

study (v) शिकप, अभ्यास करप; बारिकसाण घेवप; • **(n)** अभ्यास; शिकप; नियाळ; □ अभ्यासिका; • **studied (adj)** जाचो अभ्यास केला असो; □ जाणा जावन केल्लो; बळयां, मुजरत केल्लो; • **studious (adj)** मन लावन शिकपी; चिंतून निर्णय घेवपी; उद्देगी.

stuff (n) मुळावी वस्त; □ कित्यांतूय भितर भरपाचो जिनस (कुंडो, तिसत्यो बी); □ खाण; • **(v)** उपाट भरप; चोंदून भरप; □ (कोंबयेंत बी) मसालो आनी हेर जिनस भरप; □ मेल्ल्या प्राण्याचे कुडींत कुंडो भरप; □ भकप; • **stuffing (n)** भरचेलो जिनस (पुरण; मसालो; कापूस; कुंडो बी); • **stuffy (adj)** (जागो) घुसमटमाराचो; दमट; □ (सभावान) फडफडो.

stultify (v) जें करून जालां तें इबाडप; आपलेच करणेन आपलेंच काम इबाडप.

stumble (v) कित्याकूय पांय आडखळून वा आपटून लकप वा पडप; घुसपत चलप; □ आडखळत उलोवप; उलयतना आडखळप; मोट्यान वाचूंक वा उलोवंक अनमनप; • **stumbling-block (n)** आडबारें; आडमेळें; वाटेंतलें (विघ्न).

stump (n) मुंडो; रुखाचें कांड कातरतकूच उरता तें खोड; मोडिल्ल्या दांतांचें उरिल्लें मूळ; □ लुंड; □ सिगाराचें पोंतेर; □ क्रिकेटीचें एक दांडूल; • **(v)** पांय आपटीत वचप; □ कुवाड्यांत पडप; □ क्रिकेटींत बॉल स्टंपाक लागिल्ल्यान बाद जावप; • **stumpy (adj)** गिड्डो आनी ठणठणीत.

stun (v) तकलेर धपको मारून बेशुद्ध करप; □ धक्को दिवप; अजापान तटास करप; चकासूर करप; □ कान किटप; • **stunning (adj)** पळयतल्यान तटास जावपासारको (देखावो, प्रसंग).

stunt (v) वाड खुटप; म्हुटेवप; • **(n)**

(घो) स्टंट; अजापाची करामत; लक्ष ओढुंक केल्ली करणी; □ बतावणी; फोत्र; भोवस्ताळे.

stupefy (v) गोंदळावप; अजापांत घालप; कुवाड्यांत घालप; □ तकली चलना जावप; मती गोंदळप; □ चकासूर जावप.

stupendous (adj) (वावर) आकांताचो; खडेगांठ; अजापाचो.

stupid (adj) मूर्ख; चक्रम; अक्कलशून्य; दड्डो.

stupor (n) मोरो वा घुंवळे-वखदान लागिल्लें माणें; सयराणाभायली अवस्था.

sturdy (adj) घटमूट; मानाय कसो; □ घट बरें (फर्निचर).

stutter (v) चोंचरें, गागयें उलोवप.

sty, stye (n) (दोळ्याचे पातयेक जाल्ली) दोंगरपुळी; आंदुल्ली.

style (n) (घो) स्टायल; मोद; थाट; तरा; पद्दत; धाटणी; □ नखरो, मोड; □ भपको; नेट; □ दुकानाचें, धंद्याचें नांव, • (v) खाशेलें पद्दतीन मांडप; आखणी करप, लोकामुखार विशिश्ट नांवान येवप, वचप, वावरप; • **stylish (adj)** नवे मोदीचो, फैशनीचो; मोडीचो; भपक्याचो, बडवचाराचो; • **stylist (adj)** जाची खाशेली अशी मोद वा शैली आसा असो लेखक, वक्तो बी; □ नव्यो नव्यो मोदी करपी.

stylus (n) ग्रामोफोनाची सूय; कोरांतून बरोवचेलें पेन.

suave (adj) (सभावान) गोड, मधूर; नकसूद; मंजूळ; नाजूक.

subcommittee (n) उपसमिती; पोटसमिती.

subconscious (n) अंतर्मन; अतर्मनाचे वेव्हार; • (adj) नकळटना चलपी (मनाचे वेव्हार); अंतर्मनाच्यो (इत्सा).

subcontinent (n) उपखंड.

subdivide (v) [illegible] वांट्याचे आनीक वांटे करप.

subdue (v) आळाबंदा हाडप; [illegible] जिखप; ताबो मेळोवप.

sub-editor (n) उपसंपादक.

subheading (n) पोट-[illegible] उपशिर्शक.

subhuman (adj) उणाक; [illegible] (मनशाक फावता ताचे परस) [illegible] मनीसपणाभायरो.

subject (n) (चर्चेचो) [illegible] [illegible] मनीस; • (v) शेकापोंदा [illegible] प्रक्रियेंतल्यान काडप; (त्रासांत) घाप. • **subject to (adv)** अटीचेर.

sublime (adj) उन्नत; उत्कृश्ट [illegible] उच्च; म्हान; • **sublimation (n)** उन्नयन.

submarine (adj) [illegible] पोटांतल्यान वचपी; • (n) पाणबुडी.

submerge (v) [illegible] मारप; □ गुल्ल जावप.

submersible (adj) बुडपा[illegible] उफेना असो; खरीक वचसारको.

submit (v) दुसऱ्याचे पांगेंत [illegible] दुसऱ्याची सत्ता मानप; मोन्यानी [illegible] परिस्थितीक शरण वचप; □ आपली [illegible] मांडप; मागणें करप; • **submission (n)** [illegible] अवस्था; □ नमळाय; नम्रताय; □ [illegible] निवेदन; • **submissive (adj)** [illegible] नम्र; [illegible]

subnormal (adj) [illegible] (तापमान) [illegible]

subordinate (adj) [illegible] हातासकयलो; शेकापोंदचो; [illegible]

आश्रित; □ दर्ज्यान, म्हत्वान उणो; □ दुग्यम.

suborn (v) फट सोपूत दिवंक लावप; फुसलावन गुन्याव करूंक लावप; लटकी गवाय दिवंक लांच दिवप.

subscribe (v) निशाणी करून मान्यताय दिवप; सांगात परगटावप; फाटबळ दिवप; □ वर्गणीदार जावप; देणगी दिवप; □ हयकार, सहमती दाखोवप; • **subscriber (n)** निशाणी करून मान्यताय दाखोवपी; सहमती परगटावपी; □ पटी भरपी; देणगी दिवपी; □ वर्गणीदार; • **subscription (n)** वर्गणी; पटी; देणगी; □ मान्यतायेची निशाणी.

subsection (n) उपविभाग; पोटखण.

subsequent (adj) उपरांत आयिल्लो; मागीर जाल्लो; मागचो; मागशिल्लो; फाटलो; उपरांतचो; • **subsequently (adv)** मागीर; फाटल्यान; उपरांत.

subservience (n) लेंबडेपण; खालतेपण; लाचारपण.

subside (v) (हुंवार बी) देंवप; फाटी सरप; उणो जावप; न्हिवप; वादळ, मोड शांत जावप.

subsidiary (adj) पालवी; आधारी; भर घालपी; उप (विभाग); पुरवणेचो; • **(n)** एके व्यापारी कंपनीखाला वावुरपी दुसरी कंपनी.

subsidize (v) आधार, पालव, कुमक दिवप; दुडवांचो आलाशिरो दिवप; अनुदान दिवप; • **subsidy (n)** दुडवांचो आधार, पालव; अनुदान.

subsist (v) (पालवान, आधारान) जियेवप; तगप; वांचप.

substance (n) वस्त; जिनस; पदार्थ; सत्व; सार; तात्पर्य; गरोप; म्हत्वाचो भाग; आस्पत.

substandard (adj) पांवड्यान, दर्जान उणो.

substantial (adj) साराचो; घटायेचो; □ पावसारको; □ घे म्हणून; चकचयाळ; जाय तितलो; □ भारी; म्हत्वाचो.

substantiate (v) दाखलो दिवन सिद्ध करप; गवाय दिवप; खरेपण दाखोवप.

substitute (n) बदली मनीस; वस्त; □ प्रतिनिधी; • **(adj)** एकल्याचे सुवातेर दुसरो; बदलेचो; • **(v)** (दुसऱ्याचे) सुवातेर आसप; (कामाखातीर) दुसऱ्याच्या जाग्यार बसप; दुसऱ्याचे बदली घेवप, दवरप बी.

subtenant (n) पोटभाडेकार; पोटकूळ.

subterfuge (n) निमित्त; नीब; युक्ती; पळवाट; आडस; □ चर्चा टाळूंक वा कितेंय लिपोवंक उपकरावपाची हिकमत.

subterranean (adj) भुंयेतळा आशिल्लो; धरणेपोंदचो; भुंयेभितर जियेवपी, रावपी; भुंयेभितल्ल्यान धांवपी (आगगाडी); भुंयेंत आशिल्लें (भुंयार, तळघर).

subtitle (n) पोटमाथाळो; उपशिर्शक; सिनेमा वा दूरदर्शन पड्ड्यार दाखयतात तो संवादाचो बी अणकार.

subtle (adj) सुक्षीम; सामको नाजूक; अर्थाचो बारीक भेद दाखोवपी; मार्मिक.

subtract (v) बाद करप; वजा करप; घटोवप; • **subtraction (n)** वजाबाकी.

suburb (n) शाराचे सरादेर वा भायर वशिल्लें नगर; शाराची सराद; • **suburbs (n)** शाराचे सरादेवयलो उपनगरी वाटार.

subvert (v) (कायद्यान स्थापिल्लें राज्य) कोसळावप, निखळावप, हुमटून उडोवप; • **subversive (adj)** कायद्याचें राज्य मोडून घालपाक वावुरपी (व्यक्ती वा कार्यावळ).

subway (n) पांयवाटसुराक रस्तो बालांडूंक केल्ली तळवाट; □ भुंयेपोंदच्यान

वचपी गाडयेची वाट, गाडी.

succeed (v) येस, यश जोडप; जैतवंत जावप; पास जावप; □ फळ येवप; फळादीक जावप; □ दायकी पत्करप; उतरणाधिकारी जावप; (एकलो गेलेउपरांत) दुसऱ्यान ताचो जागो घेवप; □ (एके घडणुके उपरांत) दुसरी घडणूक घडप; • **success (n)** यश; जैत; फळ; सिद्धी; प्राप्ती; तरतर; निभाव; • **successful (adj)** यशस्वी; यशवंत; येसवंत; जैतवंत; फळादीक; • **succession (n)** एका फाटल्यान दुसरें येंगे; अनुक्रम; दायकी; • **successive (adj)** उपरांतचो; फाटोफाट येवपी; लागून येवपी; क्रमीक; • **successor (n)** वारस; दायदी; उतरणाधिकारी; □ फाटल्यान येवपी, वचपी.

succour (n) आधार; पालव; मजत; आमकार; • (v) आधार दिवप, पालव दिवप.

succulent (adj) रसाळ; मधूर; □ उदकाळ (दैंट आनी पानां; चिड्डो).

succumb (v) (व्यसनाक वी) बळी पडप; मुखार्दीन जावप, भुलप; तावेत पडप; □ (जखम, दुखापत वी जावन) मरप.

such (adj) असो, हे तोचो, हा वर्णाचो; तुजे, म्हजेमारको; इतलो, इतलो लहडलो; • **(pron)** असो.

suck (v) चुपप; शोखप; निवप; □ ओढून घेवप; भितर घेवप; • **sucker (n)** शोखणी; निवणी, चुपणी, □ आपाबयलें दूध पिवपी; □ (जळचो प्राणी वा मास) चुपक; चुपणी, शोषण करपी; □ केळीचो मोको.

suckle (v) आपाबयलें दूध दिवप; स्तनपान करूंक दिवप.

sucrose (n) उशीची साखर.

suction (n) भितर ओढून घेवप; • **suction-pump (n)** (घो) सक्शन पंप; हवेच्या दाबान भितर ओढून घेवपी पंप (उदक, धुल्ल वी).

sudden (adj) अकस्मात, अचकीत घडिल्लो; • **suddenly (adv)** अकस्मात; अचकीत; अगावीत.

suds (n) साब्बाचो फेण; बोमाडे.

sue (v) कायद्याच्या आधारान फिर्याद करप; □ मागणें करप; निवेदन करप.

suede (n) बोकडेचें, शेळयेचें मोव तुसतुशीत चाम.

suffer (v) (त्रास, उपाद) भोगप; (कश्ट) सोसप, उसपप, काडप; अणभव घेवप; नुकसान भोगप; धडूक, चलूक दिवप; • **suffering (n)** दुखव; त्रास; भोग; कश्ट; तापत्रय; उपाद; व्यथा; पिडा; नुसकान; उतळताप; आटेविटे.

suffice (v) (जिनस वी) पावप; पावपामारको आसप; पुरे पडप; तृप्त करप; समाधान करप; गरज भागोवप; • **sufficient (adj)** पावसारको; जाय तितलो.

suffix (n) प्रत्यय; अंतसर्ग; मुखार जोडपाचें अक्षर वा अक्षरां.

suffocate (v) घुसमटप; घुसमटावप; जीव कुसार जावप, घुसमटून मरप; घुसमटावन मारप; • **suffocation (n)** घुसमटणी; घुसमटमार; स्वासाची अडणी; गुजगूज; कुसारमार.

suffrage (n) मताचो अधिकार; मतदान.

suffuse (v) पसरप; भरून रकप.

sugar (n) साखर; • (v) साखर घालप; □ गोड उतरांनी सांगप; साखरेचो लेप लावप; • **sugar apple (n)** शिताफळ; • **sugar-cane (n)** उशिकांडो; • **sugar-cane slice (n)** करवो; • **sugary (adj)** चड गोड.

suggest (v) सुचोवप; प्रस्ताव मांडप; □ सुचप; मनांत घोळप; घोळोवप; □ बुद्द दिवप; □ संकेत करप; कानार घालप; उगडास करप; • **suggestion (n)** सुचोवणी; प्रस्ताव; (दुसऱ्याक दिल्ली) बुद्द; मत.

suicide (n) आत्महत्या; आत्मघात; • **suicidal (adj)** आत्मघातकी; आत्महत्या करूंक सोदपी; आपूण आपल्या मरणाक आपोवणें दिवपी; नश्टाक आपोवणें दिवपी.

suit (n) (घो) सूट; एकेच तरेच्या लुगटाचो पुराय सूट (कोट, पँट, जाकीट बी); □ न्यायालयांत दाखल केल्ली फिर्याद; • **(v)** समाधान जावप; गरज भागप; पुटवप; □ योग्य करप, जावप वा आसप; सोबप; □ मेळ बसोवप; जुळोवप; • **suitcase (n)** (घो) सुटकेस; प्रवासी बॅग; • **suited (adj)** फावोसो; चप्प बसता असो; जथापथ; • **suitor (n)** (कायद्यान) वादी; फिर्यादी, खटलो घालपी; पक्षकार; □ लग्नाक मागणी घालपी दादलो; • **suitable (adj)** फावोसो; योग्य; पात्र; लायक; उपेगी; सोबपी.

suite (n) (घो) स्वीट; कुडींत मांडिल्ल्या फर्निचराचो सट; रावपाच्या कुडींचो ब्लॉक; □ वाद्य-संगीत मेळ.

sulk (v) भितल्ले भितर रागार जावप; फुगार जावप; • **sulky (adj)** घुमो; रागान फुगार जाल्लो; तिडकल्लो.

sullage (n) हळशीक; घाण; चिखल; घाणयारें उदक.

sullen (adj) पिरंगणो; फडफडो; खंती; दुर्मूख; म्हेळो.

sully (v) खतावप; म्हेळावप; इबाडप; □ (नांवाक) दाग, काळें लावप.

sulphur (n) गंधक.

sultry (adj) हवा दमट, घुसमटमारांची, गुजगुजीत, मोड येवपापयलींची.

sum (n) एकंदरी; बेरीज; मेळणी; जमो; □ रक्कम; दुड्डु; संख्या; □ गणीत; उदाहरण; □ सार-सरांव; □ रास; लोट; • **(v)** बेरीज करप; वट्ट करप; एकंदर करप; • **sum up, summing up (v)** सार-सरांव मांडप; चर्चेचो समारोप करप.

summarize (v) थोडेभितर सांगप; सार मांडप; • **summary (n)** सार-सरांव; संक्षेप; थोडेभितर आटापणी.

summation (n) सगले मेळून कितले जातात ताची मेजणी; बेरीज; □ न्यायालयामुखार प्रतीवादीन केल्ली आटापणी.

summer (n) गीम; गिमाळो; तापीचे दीस; • **(adj)** गिमाळ्यांतलो; गिमाळी (दीस).

summit (n) दोंगराचें तेमूक; माथो; कळस; घूड; □ परमावधी; □ ऊंचल्या पांवड्याच्या अधिकाऱ्यांची बसका; राष्ट्रप्रमुखांची बसका.

summon (v) (न्यायालयान बी) आपोवप; येवंक कळोवप; उपस्थीत रावंक फर्मावप; □ (बसका) आपोवप; □ काळीज, धाडस करप; • **summons (n)** हाजीर रावंक फर्मावणी (न्यायालयाची बी).

sump (n) इंजिनाक भितर तेलाची पुरवण करपाची टांकी; इंजिनाचें इबाडिल्लें तेल जमा जाता ती सुवात; □ हळशीक, घाण, कोयर बी उडोवपाचो टांक; फोंडवा-बांय.

sumptuous (adj) चड खर्चाळ; उंची; दबाज्याचो; घणघणीत; पंचपक्वान्नांचें (जेवण बी).

sun (n) सूर्य; सुर्या; □ दीस; वेळ; □ वत; उजवाड; प्रकाश; • **(v)** वताक दवरप; वत दिवप; • **sun-bath (n)** उकत्या आंगार वत घेवप; वताचें न्हाण; • **sunbeam (n)** सूर्य-किरण; वताची

तिरपी; • **sunburn** (n) वताचे तापीन कातीच्या रंगांत जाल्लो बदल; वतान करपल्ली कात; • **Sunday** (n) आयतार; • **sundial** (n) सूर्य-घडयाळ; वता-घडयाळ; एक साधन जांतलें पट्टेचेर वत पडून पट्टेचे सावळेवयल्यान वेळ कळटा; • **sunflower** (n) सूर्यफूल; • **sunglasses** (n) वताचें ओकन; वताच्या त्रासांपासून दोळ्यांची राखण करपी चश्मो; • **sunlight** (n) सूर्यप्रकाश; उजवाडा-वेळ; दिसा-उजवाड; • **sunny** (adj) प्रसन्न; उजळ; प्रकाशमान; उजवाडीत; उमेदी; हासऱ्या मुखामळाचो; □ वतातलो; • **sunrise** (n) सूर्योदय; उदेव; • **sunset** (n) सूर्यास्त; दीस पडप; तीन कातरी वेळ; • **sunshade** (n) वता-आडोस; वताची सत्री; • **sunshine** (n) सूर्याचो उजवाड; सूर्याची ऊब; वत; लकलक; आनंद; • **sun-stone** (n) सूर्यकांत मणी; • **sunstroke** (n) ताप-झीट; वता-घुबळ; तिरमिरी.

sundry (adj) कांय; जायते, विविध; तोकलाद; वेगळेवेगळे; • **sundries** (n) अवांतर, फुटकळ वस्तू; फुटकळ खर्च.

sup (v) रातीचे जेवण जेवप; □ लहान लहान घोट घेवन वा लहान कुलेगत पियेवप; • (n) लहान घोंट.

super (adj) बेस बरो; अपरूप; चालतापरस चड; • (prefix) वयर; (ताचे) परस.

superable (adj) जो वाल्लाडुंक जायत, हुपूक जायत असो; जाचेर जैत जोडूं येत असो.

superannuate (v) पेंसांव दिवप; पिरायेक लागून निवृत्त करप.

superb (adj) अती सुंदर; अती उत्तम; चड सोबीत.

supercilious (adj) गर्विश्ट; वडवचाराचो; जाणवाय; आपणाक कोणतरी चड वड मानपी; दुसऱ्यांक लहान मानपी.

superficial (adj) उखलापो; खोलाय नाशिल्लो; उथळ; उथापन; वयलेचागचो; अडेचो; गिन्यान नाशिल्लो; □ तोंडापुरतो; □ तळावयलो; वयल्या आंगासंबंदीत.

superfine (adj) अती उत्तम; उत्तम प्रतीचो; बऱ्यांत बरो; बेस बरो; सामको नकसूद.

superfluous (adj) गरजेपरस चड; अदिकतराचो; वरकड; अवांतर.

superhuman (adj) दैवी; मनशाचे तांकीपेलो.

superimpose (v) वयर दवरप; माथ्यार बसोवप.

superintendent (n) अधिक्षक; मचालक; प्रबधक; कारभारी; निरिक्षक; • **superintendent of police** (n) पोलीस अधिक्षक.

superior (adj) वयलो; वरिश्ठ; वरतो; श्रेश्ठ; म्हालगडो; ऊंचेलो; बरे जातीचो; संस्कृत चड.

superlative (adj) सगल्यांपरस चड, ऊंच; सगल्यांपरस अपरूप.

superman (n) (पो) सुपरमॅन; म्हामानव; अती पराक्रमी मनीस; (येवजणेंतलो) परिपूर्ण मनीस.

supermarket (n) (घो) सुपरमार्केट; परसवसारीक जिनसांचें चड दुकान.

supernatural (adj) अद्भूत; मनशाक समजुपाचे शक्तीपेलें.

supersede (v) (दुसऱ्याचो) जागो घेवप; (दुसऱ्याचे) बदला उपेग करप; (दुसऱ्याचे) सुवातेर रुजू जावप.

supersonic (adj) आवाजापरस वेगान धांवपी.

superstition (n) अंधविस्वास; जें खबर ना ताची भिरांत, ताचेर भावार्थ.

supervise (v) देखरेख करप; दोळो दवरप; • **supervision (n)** देखरेख; नदर दवरप; पाळटी; • **supervisor (n)** पर्यवेक्षक.

supine (adj) उदारो; आळशी; सुस्त.

supper (n) दिसा अखेरचें जेवण.

supplant (v) दुसऱ्याक निखळावन ताची सुवात हातासप (आडगां नाडगां करून).

supple (adj) मोव; विळविळीत; हालोवं-बागोवं येता असो; घटसाण नाशिल्लो; □ सांगिल्लें करपी; सोपेपणी मान्य जावपी, बदपी.

supplement (n) भर, भरताड; पुरवण; परिशिश्ट; जोडणी; उणें आशिल्लें भरून काडपी जोडपानां.

suppliant, supplicant (n) अर्जदार; मागणें करपी; नमळायेन मागपी.

supply (v) गरजेच्या म्हालाची पुरवण करप; उणाव भरून काडप; • **(n)** पुरवण; सांठो; • **supplier (n)** म्हालाची पुरवण करपी; जाचेकडेन म्हाल मेळटा तो; • **supplies (n)** खाणा-जेवणाचे, घरसंवसाराचे जिनस.

support (v) भार पेलप; धिगी लावप; आधार, मजत करप; सांबाळ करप; आलाशिरो दिवप; फाट्बळ दिवप; खर्च चलोवप; • **(n)** धिगी; आधार; फाटबळ; आलाशिरो; पोटापाणयाची मजत; • **support (n)** आधार, मजत करपी; फाटबळ दिवपी; समर्थक; तेंको दिवपी.

suppose (v) अदमास करप; कल्पनेन खरें मानप; (अशें, तशें) धरून वचप; समज करून घेवप.

suppress (v) (बंड, चळवळ, उठाव बी) चिड्डप; अंदप; दामप; □ (खबर बी) लोकाक कळपापासून आडावप; बंद करप; नश्ट करप; गुपीत दवरप; • **suppression (n)** दडपशाय; चिड्डणी; आंवळणी; अंदणी; आडावणी; घुसमटावणी.

suppurate (v) पूं जावप; पुलेवप; पुलेणा भरप.

supra (adv) वयर; पयलीं; • **(prep)** अदीक, वयर.

supreme (adj) सगल्यांपरस व्हड, वरिश्ठ; सर्वोच्च; सर्वोत्तम; सर्वश्रेश्ठ; • **supremacy (n)** श्रेश्ठताय; प्रधानताय; प्रभुत्व; वरतेपण; व्हडपण.

surcharge (n) (घो) सरचार्ज; अधिभार; वरकड पटी; • **(v)** वरकड पटी लावप.

sure (adj) खात्रेचो; भरवंशाचो, दुबावाविरयतचो; विस्वासू; अचूक; मोख चुकोवचोना असो; जंय वाद ना असो; पारखिल्लो; □ जाका खात्री आसा असो; • **surety (n)** खरेपण; खात्री; भरवंसो; □ जामीन; फियादोर; हवालो दिवपी.

surf (n) देगेक आपटुपी ल्हारां; ल्हारां आपटले उपरांतचो फेण.

surface (n) वयलो तळ; भायलें आंग; भायली वट; उदकाचो, जमनीचो बी वयलो थर.

surfeit (n) खाणा-जेवणाची अतिताय; भक; वसवस; रगडी; • **(v)** पोट फुटसर जेवप; रगडी मारप.

surge (v) (ल्हारांभाशेन) नेटान फुडें सरप; आंगार येवप; सैन्यान नेटान फुडें सरप; □ मनांत येवप.

surgeon (n) (घो) सर्जन; शस्त्रक्रिया, ऑपरेशन करपी वैज; • **surgery (n)** (घो) सर्जरी; शस्त्रक्रिया; शल्यशास्त्र; □ ऑपरेशन थिएटर; □ वैजाचें सल्लो दिवपाचें ठिकाण.

surly (adj) फडफडो; तापट.

surmise (v) अंदाज करप; अदमास करप; (मनांत) धरून वचप.

surmount (v) (अडचणी बी) बालांडप; हुपप; जैत जोडप; निवारण करप; □ ऊंचाटेर पावप.

surname (n) आडनांव; कुळनांव; उपनांव; वरतें नांव.

surpass (v) (दुसऱ्याक फाटीं घालून) फुडे सरप; (दुसऱ्यापरस) करणेन बरो जावप; वरतो जावप; बरे-वायट करणेन दुसऱ्याक फाटीं घालप.

surplice (n) पादीचो धवो चोळो; चोगो; लोब.

surplus (adj) अदीकतरांचो; वरकड; चडावत; हातांत चड, बाकी उरिल्लो.

surprise (n) अजाप, थटाकणी; नवल; अचर्य, • (v) अजापांत घालप, कुवाड्यांत घालप; □ अवचीत येवप.

surrealism (n) कलेंतल्यान कलाकाराच्या अंतर्मनाची परगटणी करू येता आनी करची अशें सांगपी विचार.

surrender (v) शरण येवप, वचप; दिमी मोडप; आत्मसमर्पण करप, आशिनाशिल्लें मुखार दवरप; हार मानप, आपणाक दुसऱ्या सुवादीन करप.

surreptitious (adj) लिपचोरया केल्लें (काम); गुमानीत (कर्तूब बी).

surrogate (n) बदली; दुय्यम; अडेचो.

surround (v) रेवाडो घालप; घेरप; घेरो घालप; वेश्टण घालप; सगल्या बाटांनी रावप; भोंवतणी रावप; • **surrounding** (adj) भोंवतणचो; शेजारचो; • **surroundings** (n) शेजार, भोंवतण; भोंवतणची वसती.

surveillance (n) तेळणी; पाळटी, बारीक नदर (दवरप).

survey (n) (घो) सर्वे; सर्वेक्षण; नियाळ; अभ्यास; वाको; □ जमनीची बी मेजणी-मापणी; जमनीची मापणी दाखोवपी नकसो; • (v) तपासप; नियाळप; जमीन मेजप-मापप; • **surveyor** (n) जमनीचें मेज-माप घेवपी; जमनीचें, इमारतीचें, इस्टेटीचें दुडवांनी मोल थारावपी; अपघाताक लागून जाल्ल्या लुसकानाचो अदमास करपी.

survive (v) (संकश्टा उपरांत, अपघाता उपरांत) वांचून उरप, तगप; □ (आपल्या मनशाच्या मरणा उपरांत) जिवें उरप, जगप; □ सर्तीत तिगप; • **survival** (n) तगणी; जिवें उरप.

susceptible (adj) रोखडोच मनाक लावन घेवपी; लागरो; दुखरो; मोवाळ, नाजूक; कळवळपी; गळगळो; भुलपी; तायणेंत पडपी.

suspect (v) दुबावप; दुबाव खावप; मनांत रिगप; (अशें तशें) जावं येता अशें धरून चलप; • (n) दुबावीत गुन्यावगार; पातयेव नज असलो; जाचो दुबाव येता असो; • **suspicion** (n) दुबाव; दुबावाची भावना, संशय.

suspend (v) हुमकळावप; लांबोवप; अधातरप झेलप; □ (नोकरेवयलो) तत्पुरतो काडप; कार्यक्रम तत्पुरतो बंद दवरप; तत्पुरती बंदी घालप; स्थगीत करप; कळाव लावप; रावोवप; • **suspense** (n) जातलें काय ना, घडटलें काय कितें हेविशीं मनांत दुगदुग, हुसको; • (adj) अनामत (खातें); • **suspension** (n) हुमकळणी; लांबण; खळणी; स्थगिती; तत्पुरती मनाय; □ वाहनान गचके खावचे न्हय म्हणून वापरचेलें साधन (स्प्रिंगो बी).

sustain (v) वजन, भार पेलप; आधार, फाटबळ दिवप; चालू दवरप; उखलून धरप; (दुखापत) जावप, सोंसप; गरज बी भागोवप; □ (न्यायालयांत मांडिल्लो मुद्दो) धरप; ग्राह्य

जावप.

suture (n) शिवण; टांको; दोरो घालून जोडिल्लो सांदो; • (v) घाय शिंवप; टांको मारप.

suzerain (n) राजा; राज्यकर्तो; □ दुसऱ्या देसाचेर सत्ता गाजोवपी देस.

swab (n) तोंकाक लुगट बांदिल्ली बडी (जमीन निवळ करूंक बी); कापसाची गुठली (वैजकी उपचाराक).

swag (n) चोरयेचो म्हाल; आडमार्गाची जोड; लूट.

swagger (v) आपलेच तनेंत चलप; व्हड मनीस जाल्ले भाशेन तंवकत चलप; झेत मारप.

swallow (v) गिळप; गिळून पोटांत घालप; आंयडो घोटप; मट्ट करप; (भुंयेन) पोटांत घेवप; (अपमान बी) गिळप; • (n) एक शेवणें; पाकोळी; पिटकोळी; कांटयाळी.

swamp (n) मायण; खातोण; रेबट; शेळ; खाजन; • (v) तारूं लोटान उदकाभरवण जावप; □ वावरांत बुडोवप.

swan (n) एक पक्षी; हांयस; हंस; बदक.

swank (v) बडायो मारप; फटाशो मारप; बडवाचार गावप; • (adj) भपक्यांचो; बडायो मारपी; गर्विश्ट.

sward (n) चरवाचें, बारीक तणाचें व्हड मळ.

swarm (n) मुखार संरपी (मुसांचें) मालें; (किड्यांचो) चोमो; (मनशांचो) पोंवो, जमो.

swarthy (adj) कातीन काळो; वतान काळो जाल्लो, करपल्लो.

swashbuckler (n) मवाली, गुंड.

swat (v) चेपटे वस्तून मारप (मूस बी); धपको मारप.

swath (n) लुवणे उपरांत निवळ जाल्ली शेताची शीर; रस्तेन मांडिल्लें लुविल्लें भात.

swathe (v) (लुगटान बी) घट्ट गुठलावप, बांदप.

sway (v) झेलप; झेल घेवप; □ सत्ता आसप; परिणाम करप, करून घेवप; • (n) झेल; सत्ता; अधिकार; ताबो.

swear (v) सोपूत घेवन सांगप; प्रमाण जावप; सत सांगप; सोपूत घेवंक लावप; □ गाळी सवप; खेपप; शिराप घालप; • **sworn** (adj) सोपूत घेतिल्लो; प्रमाण जाल्लो; □ (इश्ट) जीवनकळेचो; जिवाभावाचो; (दुस्मान) खडेगांठ; कट्टर.

sweat (n) घाम; हूम; □ कश्टांचें काम; • (v) घामान भरप; घाम येवप; घामाघूम जावप; □ घाम येसर काम करप; कश्टप; • **sweaty** (adj) घामान भिजिल्लो; चिप्प जाल्लो; घामाचो (वावर); जाका घामसाणी मारतात असो.

sweater (n) (घो) स्वेटर.

sweep (v) झाडप; सारण मारप; कोयर काडप; निवळ करप; □ (आंगळां) भोंवडावप; फापडप; नेटान भितर सरप; □ पसरप; व्यापप; • (n) सात्र; निवळसाण; आटाप; आवाठ; व्याप्ती; • **sweeper** (n) रस्ते बी निवळ करपी कामगार; □ जमखानां, गालिचे बी निवळ करपाचें साधन; • **sweeping** (adj) चड पयसमेरेन पावपी; परिणाम करपी; सरसकट; • **sweepings** (n) पुंजायल्लो कोयर.

sweet (adj) गोड; मधूर; गोडें; म्होंवें; सावें (नुसतें); □ (आयकूंक) सुरार; गोड; □ (दिसूंक) सुंदर; ओडलायणो; • **sweet** (n) मिठाय; गोडशें बी; • **sweeten** (v) गोड करप; गोड जावप; म्होंवें करप, जावप; • **sweetheart** (n) मोगा; मोगीण; प्रिया; प्रेयसी; मोगी; प्रियकर; काळजा-गोंडो; • **sweetmeats** (n)

मिठाय, गोडशें बी; खाणाचे गोड जिनस; • **sweetness (n)** गोडसाण; मधूरसाण; • **sweet potato (n)** कणंग.

swell (v) (बोमाड्याभाशेन) फुगप; सुजप; मोटो जावप; उबारी येवप; तट्टटप; □ (दर्याक बी) भरती येवप; खोशी जावप; धादोसप; • **(n)** वाड; सूज; फूग; उबारी; भरती; तट्टट; • **swelling (n)** सूज; फूग; उबारी; दादड; • **swollen (adj)** सूज आयिल्लो; मोटो जाल्लो; वाडिल्लो; फुगिल्लो; • **swollen headed (adj)** गर्विश्ट.

swelter (v) उजो मारिल्ल्यान नाका-पुरो जावप; उबाळांक लागून घामाघूम जावप.

swerve (v) कडेक सरप; घुंवप; वळप; मोडण घेवप; • **(n)** मोडण; वोल्त.

swift (adj) सुडमुडीत; तुरतुरीत; बेगीबेगीन; रोखड्यारोखडो; धावींधावीं; • **(n)** एक शेवणें.

swig (v) गटगट पियेवप; घोटप; • **(n)** व्हड घोंट.

swill (v) उदकान धुवप; निवळ करप; □ घोटप; गटगट पियेवप; • **(n)** (दुकराचें) घोण; (गोरवाचें) आंबोण.

swim (v) पेंवप; पेंवून बालांडप; उफेवप; व्हावप; • **swimmer (n)** पेंवपी; पेंवपाक कळटा तो; • **swimming-pool (n)** पेंवपाची तळी.

swindle (v) (दुड्यांक) दुसऱ्यांक नाडप; अफरातफर करून फटोवप; • **swindler (n)** ठक; नाडगो.

swine (n) दुकर.

swing (v) हेवटेन तेवटेन झेल घेवप; झोपय घेवप; धोलप; हुमकळप; हुमकळावप; • **(n)** झोपाळो; चोफाळो; आंदुळो; झेल; • **swinging (adj)** हालपी-धोलपी; झेल घेवपी.

swipe (v) मोट्यान कशाकशें मारप; हाणप; झोपून काडप.

swirl (v) (उदकाक) भोंवरो पडप; (वाऱ्याक) भोंवरी येवप; घुंवताशें दिसप; घुंवडावप; • **(n)** भोंवरो; भोंवाडो; घुंवळ.

swish (v) बडयेचो वावडले उपरांत आवाज जावप; शिट्टेन, बेतकाठयेन मारप; • **(n)** शिट्टेचो, बेतकाठयेचो मार.

switch (n) (घो) स्वीच; विजेचो बटन; □ शिट्टी; वेत; □ मोडण; बदल; • **(v)** (रेल्वेचे रूळ बी) बदलप; लायटीचो, पंख्याचो बटन चालू, बंद करप; □ शिट्टेन मारप; □ घुंवप; मोडण घेवप.

swivel (n) (कदेलाचो बी) घुंवपी जोड; • **(v)** (कदेलाचो वयलो बसको) घुंवप.

swoon (v) घुंवळ, चिनारी येवप; झीट वचप; • **(n)** घुंवळ; चिनारी; झीट.

swoop (v) (खावड दिसनाफुडें) शेवण्यान वेगान सकयल झपाटी मारप; □ (पोलिसान गुन्यावगाराक धरूक) आंगार उडी घालप; घालो घालप.

sword (n) तरसाद; तलवार.

swot (v) परिक्षेखातीर पाठांतर करप, घोंकप; • **(adj)** दीसभर पुस्तकांत मुंगारलेलो.

sycophant (n) लेंगलेंग करून आपलें सादोवपी व्यक्ती; लेंबडो; • **sycophancy (n)** लेंबडेपण; लेंगलेंग.

syllable (n) अक्षर.

syllabus (n) अभ्यासक्रम; पाठ्यक्रम.

sylph (n) परी; सुंदर नाजूक बायल.

symbol (n) प्रतीक; नमुनो; लक्षण; निशाणी; चित्र; खुणा; पत; • **symbolic (adj)** प्रतिकात्मक; दाखोवपापुरतो; नमुन्याचो; पतीचो.

symmetry (n) संतुळा; नेटकेपण; रेखीवपण; समरुपताय.

sympathetic (adj) बुजवण दिवपी;

दुख्खांत वांटेकार जावपी; आपलेपणाचो; • **sympathize (v)** बुजवण दिवप; आपलेपण दाखोवप; दुख्खांत वांटेकार जावप; सांगात दिवप; • **sympathy (n)** बुजवण; आपलेपण; कळवळो; काकूट; समजिकाय.

symphony (n) सुमेळ; सूरमेळ; वाद्यमेळ; सूरसंगत.

symposium (n) परिसंवाद, चर्चा, भासाभास करूंक आपयल्ली बसका; चर्चेचो कार्यक्रम; □ निबंद-संग्रह.

symptom (n) खुणा; लक्षण; चिन्न; □ रोग-लक्षण.

synagogue (n) ज्यूंचें प्रार्थना मंदिर.

synchronize (v) एकाच वेळार घडप; घडोवन हाडप; एकाच वेळार घडत अशी मांडणी करप.

syndicate (n) व्यापार-धंद्यापासत केल्लो एकवट; वेवसाय संघ; कार्यकारिणी; □ नेमाळ्यांक चित्रां, लेखांची बी पुरवण करपी संस्था.

syndrome (n) विकृतायेफाटल्या लक्षणांचो पुंजो.

synod (n) धर्मगुरुंची सभा; धर्मसभा.

synonym (n) एकाच अर्थाचें दुसरें उतर; पर्याय; समशब्द; समानार्थी उतर; • **synonymous (adj)** बरोबरचो; समान अर्थाचो.

synopsis (n) संक्षेप; सारांश; तर्जुमो; मसुदो; कथासार; □ फोडणिशी; खुलासो.

syntax (n) वाक्याची रचणूक; वाक्य-विचार.

synthesis (n) आटापणी; सुमेळ; • **synthetic (adj)** मेळोवन तयार जाल्लो; सुमेळाचो; संयोगाचो; • नकली; कृत्रिम.

syringe (n) (घो) सिरींज; इंजॅक्शन दिवपाचें साधन; पिचकारी; द्रव ओडून काडपाचें साधन.

syrup (n) शारोप; सरबत; □ पंक; □ कडो; आसव; पनक.

system (n) मांडावळ; पद्दत; येवजण; यंत्रणा; वेवस्था; • **systematic (adj)** रितीन करपाचो; नेमांप्रमाण करपाचो; मांडणेचो; क्रमाचो; पद्दतीचो.

systole (n) काळजाची आंवळणी; आकुंचन.

■

T t

T t रोमी अक्षरमाळेचें विसावें अक्षर.

tab (n) सोबचें फीत (कपड्याक बी लायतात तसलें); खमीस, जुदी हुमकळावक, कालसावाक पटो घालूक लायतात ती पिटकी; फिताचें आरगोल; बुटाचें फीत; बुटाची जिबली; फायल वा फायलींतली कागदां पळोवक लायतात ती वळख-पट्टी.

tabernacle (n) रावपाखातीर किरकोळशें घर वा तंबू, मंटप; थाणें; ठिकाणें; रावतिका; □ मनीस-कूड, □ (इगर्ज सोडून) मंदिर; • **(v)** आलाशिरो दिवप; रावप; तंबू ताणप; तत्पुरती रावतिका करप.

table (n) टेबल; मेज; □ सपाट जमीन; □ कोश्टक; जंत्री; तकटो; □ मेजाभोंवतणी चर्चेक बशिल्लो लोक; • **(v)** (प्रस्ताव) मांडप; (सुचोवणी) करप; • **tableland (n)** सपाट वाटार; • **tablespoon (n)** (जेवणाच्या मेजावयलें) व्हडलें कुलेर.

tableau (n) चित्ररथ.

tablet (n) कसलीय गुळी, (वखदाची बी) गुळी; □ (शाब्बाचें बी) काप; □ उतरां कोरांतिल्ली फातर.

tabloid (n) थारावीक आकाराचें (30 cm x 40 cm) कुचकुचीत फोटे आनी भडक खबरो दिवपी वर्तमानपत्र; □ खबरां-पत्रिका.

taboo, tabu (adj) धर्मान, परंपरेन मना केल्ली (गजाल).

tabular (adj) तकटो वा कोश्टक कसो मांडिल्लो (निकाल बी); • **tabulate (v)** तकटो, जंत्री करप; • **tabulation (n)** कोश्टकीकरण.

tacit (adj) गर्भीत; सांगिनासतना समजुपासारको; (उतराबगर) सांगिल्लो; मोनेपणातल्यान व्यक्त केल्ली (मान्यताय); • **taciturn (adj)** थोडे उलोवपी; मुमखो.

tack (n) तोपऱ्याचो खिळो; □ सारकी शिवण मारचेपयलीं घाल्लो दोरो; वाऱ्याचें तिरकस दिशेन तारवाचें वचप; □ दिशा; वाट; • **(v)** खिळ्यान घट लावप; दोरो घालप.

tackle (v) खेळांत दुसऱ्याकडलो बॉल झोपून काडप; चोराकडली वस्त ओडून काडप; □ प्रस्न हाताळप; □ अडचणी संबदान कोणाकूय विचारप; • **(n)** नुसतें पागपाच्यो वस्तू; जड सामान उबारपाचें साधन; दोरखंड, आंजो बी.

tacky (adj) चिकचिकीत; पांकट; (रंग) ओलो.

tact (n) दुसऱ्याचें मन वळखून जिस्ताजिस्त वागपाची कळाशी; खुबी; कसब; युक्ती.

tactics (n) झुजा वेळावयली सैन्याची

मांडणी, रचणूक; दाव-पेंच; हिकमत; युक्ती.

tadpole (n) निकतेंच जल्मल्लें बेबूक.

tag (n) (धो) टॅग; लेबल; खुणे-चीट, कुरवे-चीट, दरे-चीट, नांवा-चीट बी; एकादरे वस्तूक कितेंय ल्हानशें लायिल्लें; ल्हान जोडणी; □ घोळिल्ली सांगणी, म्हणणी.

tail (n) शेंपडी; कित्याचोय फाटलो लांबोडो भाग; शेव; निमाणें तोंक; • **(v)** फाटोफाट वचप; मागार वचप; • **tails (n)** नाण्याची फाटली बाजू (कुरू).

tailor (n) शिंपी; दर्जी; • **(v)** कपडे मापाप्रमाण शिंवप.

taint (v) कुशिल्ल्यां मदीं दवरून इबाडप; कुसोवप; लाशें पडिल्ल्यांमदीं (बरें फळ) दवरप; वायटाची बादा जावप; • **(n)** लाशें; काळें; कुशिल्ल्याचें खत; दोश.

take (v) धरप; उबारप; ओडप; व्हरप; घट धरप; सांगाता व्हरप; घेवप; विकतो घेवप; भाड्याक घेवप; प्रवास करप; घेवन वचप; जिखप; काडप; वजा करप; मानप; पोटांत घेवप; आयकून घेवप; (आनंद) घेवप; मतींत धरप; • **(n)** गल्लो; विक्री; □ सिनेमाचें चित्रिकरण; • **taking (n)** गल्ल्यावयली दिसपट्टी विक्री, येणावळ.

talc (n) जमनींत मेळपी एक मोव पदार्थ; अभ्रक.

talcum powder (n) पो; आंगाक वासाखातीर, ताजपाणीखातीर लावपाचो पिठो.

tale (n) काणी; कथा; खरी फट खबर; □ तड्डक; चाडी; हूल.

talent (n) आंगचो गूण; कळाशी; बुद्द; अक्कल; फिशालकाय.

talisman (n) वायटाची बादा जावची न्हय म्हणून आंगार बाळगितात तो तावज.

talk (v) उलोवप; संवाद, भासाभास, गजाली करप; • **(n)** चर्चा; भासाभास; व्याख्यान; उलोवप; चर्चेचो विशय; □ गजाली; □ हूल; • **talkative (adj)** बडबडो; • **talk big (v)** फकयो सांगप; बडायो मारप.

tall (adj) ऊंच; ऊंचायेचो; लांब; • **tall story (n)** पटूंक कठीण अशी खबर; ताल.

tallow (n) वस, चरबी (मेणवातीखातीर वापरचेली).

tally (n) नोंद; रुजवातीचो हिशोब; • **(v)** जुळप; जुळोवप; ताळ-मेळ लावप, लागप; तसोच आसप.

talon (n) बोचकूल, दावकूल (धोणीचें बी).

tamarind (n) चींच (झाड); चिंचेबोट; आमटाण.

tambourine (n) डफ कशें एक वाद्य (जाचे आटयेक खुळखुळपी चातयो आसतात).

tame (adj) मनशाळ्ळेलो; पोशिल्लो (मुळांत रानवट); मनशाची जाका भिरांत दिसना अशें (सावद); □ सभावान गरीब; दुबळो; निर्जीव; सांगिल्लें मोन्यानी करपी; • **(v)** मनशाळप; (रानवट प्राण्याक) पोसप; ताब्यांत दवरप; निटायेर हाडप.

tamp (v) माती धपटून मूख बंद करप; (सुरींग बी) धपटून भरप.

tamper (v) (कित्यांतूय, यंत्रांत बी) मेतेर जावन, हात घालून वाट लावप; बदलप; भरसप; न्हय त्यो उचापती करप; □ लांच बी दिवन कोणाकूय लागीं करप.

tampon (n) घायांतलें रगत आडावंक घाल्लो कापसाचो बी गुळो; • **(v)** घायार कापूस घालून व्हांवप थांबोवप; गुड्डो मारप.

tan (n) वतान आंगाक पडिल्ली काळपाण; पिंगसो काळसार रंग; • **(v)** चामड्याची कमाविशी करप; चाबकान मारप.

tandem (n) फाटींफुडें दोन बसका आनी दोन पेदालां आशिल्ली सायकल; एकामुखार एक अशा दोन घोड्यांची दोन चक्रांची गाडी; □ एका फाटल्यान एक अशी मांडावळ.

tang (n) मिरमिरीत वास; □ पूर्वसूची; खबरेची सुलूस; सुनशा; □ विन्नें, कानस, सुरी हांचें मुठींतलें तोंक.

tangent (n) वर्तुळाक घसटून वचरी कसलीय ओळ; • **(adj)** घसटुपी; तेंकपी.

tangerine (n) मोसबी, संत्रासारकें पूण आकारान न्हान अशें एक गोड फळ; ह्या फळाचें झाड.

tangible (adj) जें स्पर्शाक लागता, जाणवता अशें; मनाक जाचें आसप जाणवता अशें; जे वस्तूच्या रूपान आसा अशें; पटपासारकें (खरें).

tangle (n) घुसपण; घुसपागोंदळ; गोंदळाचें वातावरण; • **(v)** घुसपप; घुसपागोंदळांत सांपडप.

tango (n) लॅटीन अमेरिकेतलें एक नृत्य; ह्या नृत्याचें संगीत.

tank (n) (घो) टैंक; वाड्ली टांकी; तळी; □ रणगाडो.

tankard (n) कान आनी धापणें आशिल्लें आयदन; मग; जग; टंबलर.

tanker (n) (घो) टैंकर; तेल, उदक हाड-व्हर करपी बोट, विमान, ट्रक बी.

tanner (n) चामडें कमावपी कारागीर; • **tannery (n)** चामडें कमावपी कारखानो.

tantalize (v) आस दाखोवन निरास करप; (भावना) उचांबळावन, चाळोवन घालप; जे वस्तीखातीर मनीस लालेता ती ताका मेळटाशी करून फाटीं काडप.

tantamount (adj) तितल्याच तोलामोलाचो; ताचे इतलोच बरो; बराबर; सारकोच.

tantrum (n) रागाचो किंवाटो; भुरग्याचें गरजेभायर रागान किळांचप आनी हातपांय धाडावप.

tap (v) दरार बी हळू टकटक करप; टकटक आवाज करीत चलप; □ नळाक तोटी लावप; □ टेलिफोनावयलें दुसऱ्याचें उलोवप आयकप; □ बुटाक तळ मारप; • **(n)** टकटक आवाज; □ टॅप; तोटी; पी; □ पिपाची गुह्डी.

tape (n) (घो) टेप; लुगटाचें फीत; □ कागदाचो तीर; पत्र्याची पट्टी; □ नाडी; □ चिकटपट्टी; □ मेजपाचें फीत; • **(v)** फितान बांदप; फितान मेजप, मापप; • **magnetic tape (n)** आवाज अंकीत करपाचें फीत; • **tape recorder (n)** (घो) टेप रिकॉर्डर.

taper (v) एका पोंतान, तोंकान बारीक जायत वचप; □ किरकोळ, मोल नाशिल्लो जायत वचप; • **(adj)** बारीक जायत वचपी; निमुळटो; • **(n)** बारीक मेणवात; मंद उजवाड.

tapestry (n) वणटीवयलो नक्षीचो, विणकाम केल्लो, चित्रायल्लो बी पड्डो; सोबेखातीर विणकाम केल्लें वा चित्रां बी काढिल्लें लुगट.

tar (n) डांबर; बिरेव; □ तारवटी; • **tarred (adj)** डांबरी, बिरेवाचो (रस्तो); • **tarry (adj)** डांबरान लेपडायल्लो.

tardy (adj) वाडीक मंद; फाटसार; □ सुस्त; आळशी; (येवजिता ताचेपरस) कळाव लावपी; कळावान जावपी.

tare (n) वस्त जाणें गुठलायता त्या कागदाचें, लुगटाचें, साकाचें बी वजन, बारदन; • **(v)** बारदनाचें वजन करप; (म्हाल सोडून) फकत गाडयेचें वजन करप.

target (n) मोख; लक्ष्य; तीब; □ सरावाखातीर तीर फार जिचेर मारतात ती

वाटकुळी प्लेट; □ जिचेर राग काडटात वा टिका करतात अशी व्यक्ती; • **(v)** मोख धरप, थारावप.

tariff (n) हॉटेलाचें बी दर-पत्रक; □ आयात-निर्यात म्हालाचेर बसयल्ले मानडबयेचें पत्रक; □ मानडबी; जकात.

tarmac (n) विमानतळावयली धांवपट्टी; □ रस्त्यार घालतात ती डांबर भरशिल्ली खडी; • **tarmacadam (n)** डांबर भरशिल्ली खडी.

tarnish (v) चकचकसाण उणी जावप; रुप्याची बी वस्त खतावप; रंग वचप; ओप, गिलीट वचप; □ (नांव) इबाडप; काळें, कलंक लावप.

tarpaulin (n) ताडपत्री.

tart (adj) रुचीक; सुवादीक; आंबूस; खातूस; मिरमिरीत; • **(n)** फळांचें एक खाण.

tartan (n) तरेकवार रंगांच्यो चौकटी आशिल्लें लुगट; लांचें कापड.

tartar (n) दांतावयलो बुरो; सोन्यावयलो बुरो, कीट.

task (n) जापसालदारकेचो वावर; पत्कर घेवचें काम; करुंकूच जाय असो वावर (अभ्यास, घरसंवसाराचें काम बी).

tassel (n) गोंडो; झुबको; झालर.

taste (v) सुवाद वळखप; चाखून, खावन रूच घेवप; कशें जालां तें पळोवप; रुचीक आंबट, तीख बी लागप; रुचीन जेवप, खावप, □ अणभव घेवप; • **(n)** रूच; सुवाद; गोडी; ओड; चॅट; □ रसनेंद्रीय; • **tasteless (adj)** सयसुवाद नाशिल्लो; आतसाण-पातसाण नाशिल्लो; पचकवणी; धंकधवळ; पचको; पचपचीत; • **tasty (adj)** रुचीक; सुवादीक; सुरबूस; मधूर.

tatter (v) पिंजप; बोंदरां, तिसत्यो जावप; • **tatters (n)** फाळयो; तिसत्यो; बोंदरां.

tattoo (v) मनशाचे कुडीचेर सुयेन चित्र कोरांतून तातूंत रंग भरप; □ (धोल वाजोवन) राती वेळार शिपायांक इशारत दिवप.

taunt (v) थोमणो मारप; लागसारकें उलोवप; • **(n)** थोमणो.

tauromachy (n) बैलांच्यो धिरयो; बैलांचें झूज.

taurine (adj) बैलाभाशेन; गोरवां जातीचो; **Taurus (n)** वृषभ रास.

taut (adj) तंग; तायट.

tavern (n) तावेर्न; गादी; □ खानावळ; रावतिकेचें ठिकाण; भोंवडेकारापासत रावतिका.

tawny (adj) पिंगसो.

tax (n) सरकारी कर; पटी; सोपो; खंड; □ ताण; भार; • **(v)** कर, पटी, सोपो भरप; □ वस्तूंक कर लागू करप; कर फारीक करूंक लावप; ताण, भार घालप; • **taxable (adj)** करपात्र; जाका कर लागता असो; • **taxing (adj)** (वावर) ताण, भार घालपी; पुरो करपी; • **tax-free (adj)** जाका पटी फारीक करची पडना असो (एकादऱ्या नाटकाचो खेळ बी).

taxi (n) (घो) टॅक्सी; भाड्याची मोटार; • **taximeter (n)** (घो) टॅक्सीमीटर; मोटारीचें किलोमीटर आनी भाडें दाखोवपी यंत्र.

taxidermy (n) प्राण्याचे कुडींत कुंडो बी भरून जिस्ताजिस्त दिससारको प्राणी तयार करपाची कला.

taxonomy (n) वर्गीकरणविज्ञान.

tea (n) च्याचो पालो; च्या; च्याव; • **tea party (n)** च्याची कार्यावळ; • **tea pot (n)** च्याची बूल; च्याचें आयदन; • **teaspoon (n)** ल्हान कुलेर.

teach (v) शिकोवप; शिकोवन घडोवप; तयार करप; • **teacher (n)** शिक्षक;

गुरुजी; □ शिक्षिका; बाई; ताई.

teak (n) सायलाचें झाड, लाकूड, मदेर.

team (n) (घो) टीम; खेळांतली टीम; पंगड; सांगातान वावुरतल्यांचो संघ; □ जोत; गाडी ओडटल्या बैलांची जोडी; • **team spirit (n)** संघभावना.

teapoy (n) (घो) टीपॉय.

tear (n) दुकाचो थेंब; दूक; □ बोंथो; खांच; चील; • **(v)** पिंजप; फाळप; फर्रं करून ओढून काडप; पेंचप; तुटप; □ नेटान धांवप; • **tear-gas (n)** (घो) टियर गॅस; पोलीस फोडटात तो धुंवर-काडी.

tease (v) फकाणा मारप; तिडावप; सतावप; कोलावप; बेजार करप.

teat (n) जनावराचे हाटयेची चींव.

technical (adj) यंत्रीक; तंत्रीक; शास्त्रीय; □ नेमाक धरून; □ परिभाशीक (उतगावळ); • **technical term (n)** परिभाशीक उतर; • **technician (n)** यंत्रज्ञ; तंत्रज्ञ; □ मश्री; यंत्राचो जाणकार.

technicoloured (adj) गांत; भडक.

technique (n) तंत्र; कसब; कुशळताय; फिशालकाय; □ रीत; पद्धत.

technology (n) तंत्रविज्ञान; तंत्र, यंत्रशास्त्र.

techy (adj) पिसणो; फडफडो; चिरजळो.

tectonics (n) घर बादपाचो कला.

teddy, teddy bear (n) भुग्याचें खेळपाचें आंस्वेल.

tedious (adj) कंटाळ्याचो (वावर); उबगण हाडपी; पुरो करपी; सोंपना असो; वाजवाजयणो; • **tedium (n)** उबगण; कंटाळो; वाज.

teem (v) कुचकुचीत भरप; उपाट भरप; □ (पावस) उटगारानी पडप; चकचयाळ जावप.

teenage (n) किशोरावस्था; तेरा तीं एकुणीस वर्सां मेरेनची पिराय.

teeter (v) लकलकत चलप; लडलडप; फाटींफुडें सरप, जावप.

teeth (n) दांत (भोववचन); • **teethe (v)** दुदाचे दांत येवप; • **teething (adj)** दांत येवपा वेळावयली (दूख); एकादऱ्या वावरांत सुर्वेच्यो (आडखळी).

teetotaller (n) सोंगे पियेना असो मनीस.

telecast (n) दूरदर्शन कार्यक्रम; • **(v)** दूरदर्शनाचेर प्रस्तूत करप.

telecommunication (n) दूरसंचरण.

telegram (n) (घो) टेलिग्राम; तार.

telegraph (n) तारयंत्र.

telepathy (n) टेलिपाथी; परचिनज्ञान.

telephone (n) (घो) टेलिफोन; दूरध्वनी; • **(v)** फोन करप.

teleprinter (n) (घो) टेलिप्रिंटर.

telescope (n) दुर्बीण; पयमुलें पळोवपाचें उपकरण.

television (n) (घो) टीवी; दूरदर्शन; दूरदर्शन संच.

tell (v) सांगप; कळीत करप; आयकवप; म्हणप; उच्चारप; परगटावप; सुचोवप; वर्णप; □ परिणाम करप, जावप.

teller (n) बँकेत पयशे घेवंक, दिवंक नेमिल्लो सेवक; □ तत्काळ पयशे दिवपी बँकेतलो सेवक; • **(adj)** वर्णन करपी; सांगपी.

temerity (n) उमेटपण; चुकीचें धाडस; मस्ती; तुतनायक; □ उळउळेपण; उतउतेपण.

temper (n) मनोदशा; मनाची अवस्था; मनस्थिती; मनावयलो शेक; भान; अनियंत्रीत राग; • **(v)** तापोवन आनी थंड करून धातूक जाय तशी घटसाण हाडप; पानवळ दिवप.

temperament (n) सभावगूण; प्रकृती; धारणा; बड; कालेत.

temperance (n) उलोवपा-वागपांतली मर्याद; □ सोरो पियेवपाविशीं मर्याद, संयम; • **temperate (adj)** संयमी; आपणाचेर ताबो आशिल्लो; चड खावप, चड पियेवप वर्जुपी; □ (हवामान) मध्यम प्रतीचें; समशीतोश्ण; • **temperature (n)** (हवेंतली) ताप, थंडसाण; हवामान; तापमान; □ जोर.

tempest (n) तुफान; मोड; वादळ.

temple (n) देवूळ; देवस्थान; देवालय; मंदिर; इगर्ज बी; • **temple hospice (n)** अगरसाळ.

tempo (n) गती; वेग.

temporal (adj) संवसारीक; ऐहीक; प्रपंचीक; लोकीक; □ कानसुलाचो; • **(n)** कानसुलाचें हाड.

temporary (adj) तत्पुरतो; तितल्याच वेळापुरतो; दोन दिसांचो; □ आलायतो; सरतो; अडेचो.

tempt (v) भूल घालप; तायणेंत, मोहांत घालप; ओड लावप; न्हय तें करपाची कींव येवप; • **temptation (n)** मोह; तायणी; भूल; नसत्याची ओड; कूय; □ भूल घालपी गजाल; • **tempter (n)** भुलोवपी, मोहांत घालपी दादलो; • **temptress (n)** भुलोवपी, मोहांत घालपी बायल; □ मोहिनी.

tenable (adj) (मुद्दो बी) धरसारको; तगसारको; सांबाळीसारको.

tenacious (adj) दसून रावपी; कसोच सोडिना असो; हिंचण; सूंट कसो.

tenancy (n) वयवाट; भागेलपण; कुळवाडपण; □ कार; खंड; भाडें; • **tenant (n)** कूळ; भागेली; कुळवाडी; □ भाडेकार; • **tenant's share (n)** भागेलभाग.

tend (v) उस्तवारी काडप; जतनाय घेवप; (पिडेस्ताची बी) सेवा करप; गोरवांचो बी सांबाळ करप; □ (घडपाची) शक्यताय आसप; परपरत एकेच वटेन वचप; मोडण घेवप; • **tendency (n)** प्रवृत्ती; शक्यताय; वज.

tender (n) कारभारी; जतनाय काडपी; □ राखणो; □ रेल्वेचें इंजीन (गाडी); धक्यावयल्यान भर दर्यांत आशिल्ल्या तारवामेरेन प्रवाशांची वा म्हालाची हाड-व्हर करपी होडें; □ निविदा; खंडीत काम करपाची अर्जी; • **(adj)** नाजूक; मधूर; □ मोगाळ; □ जिवो (घाय); • **tenderness (n)** नाजूकसाण; नाजकाय; अपुरबाय; कंवळाय; माया-मोग; कोमलपण; चुरको; दया.

tendon (n) हाड आनी स्नायूक जोडपी शीर.

tendril (n) वालीक वयर चडूंक आदार दिवपी पोड.

tenement (n) भाड्या-चाळ; ल्हान ल्हान भाड्या-घरांची हाळ.

tenet (n) तत्व; सिद्धांत; मत.

tenor (n) ओग; गती; दिशा; भावार्थ; तात्पर्य; □ गावप्याचो ऊंच पट्टेर लागिल्लो सूर.

tense (n) क्रियापदाचो काळ; • **(adj)** (वातावरण) तणावाचें; ताणाचें; हुसक्याचें; • **(v)** ताणप; • **tensile (adj)** ताणूं येता असो; • **tension (n)** मानसीक ताण; चिंता; हुसको; अबको; □ विजेचो दाब.

tent (n) तंबू.

tentacle (n) कांय जिवांच्या तोंडाक आसतात तीं दावकुलां कशीं लांब तोंकां, जांतलें एक.

tentative (adj) अदमासाचो; अदमासाखातीर थारायल्लो (दीस);

धारायल्ली (कार्यावळ) पूण खात्री दिवं नज अशी; □ तत्पुरतो; प्रयोगापुरतो.

tenterhook (n) लुगट ताणपाचो आंकडो; □ हुसक्यांत पडिल्ल्या मनाची आवतिकाय; त्रांगडें.

tenure (n) अधिकार; सत्ता भोगपाचो काळ; □ भाड्याचो काळ.

tepid (adj) उळउळे; दुगदुगीत; धगमोडें; शेळमोडें; मोनें; मंद; जातूत जीवमाण ना अशें.

tercentenary (n) तीनशांचो वर्सदीस; त्रिशताब्दी.

term (n) विद्यालयाचें सत्र; कोर्टाचें सत्र; विधानसभेचें सत्र; धारावीक काळ; मुजत. □ शब्द; उतर; • (v) नांव दिवप; उल्लेख करप; वस्त वायट बरी धारावप; • **terms** (n) अटी; नेम.

terminal (adj) निमाणो; शेवटाचो; अंतीम; सगळ्यांतल्यो; • (n) विमानतळ; □ विजेचे तारचे पांत जोडपाक तो पांयट.

terminate (v) सोंपोवप; अंत जावप, करप; • **termination** (n) अंत; शेवट; □ निमाणो वर्ण.

terminology (n) खास्तेली नामावळ; परिभाशीक उतरावळ.

terminus (n) निमाणें रेल्वे स्टेशन; सीम; सराद.

termite (n) वायटी.

terrace (n) तेरांव; दोंगरचें पातलपण खणून केल्लो तळ; □ घरांची रस्त.

terracotta (n) (मूळ इटालियन) भाजिल्लो मातो; भाजिल्ले मातयेच्यो तेरकवार वस्तू.

terrain (n) पातळ्ळेली सुवात; मळ; अफाट जमीन.

terrestrial (adj) पृथ्वीसंबंदीत; भुयेर जियेवपा संबंदीत.

terrible (adj) भयांकृत; सामको वायट; आकांताळो; सुमारापरायर पिडा दिवपी; हालउपाद्रे करपी (झूज).

terrier (n) टॅरियर जातीचें सुणें.

terrify (v) थरथरावप; भंयान कांपेरो हाडप; गुळी जावप; • **terrific** (adj) भयांकृत; कांपेरो हाडपी; थरथरायणो; □ भयंकर (सुंदर); मस्त (जेवण).

territory (n) प्रदेश; भूय; सनेखाला आशिल्लो वाटार; □ (अभ्यासाचो वी) विशय; वाटार.

terror (n) थरथर; कांपेरो; आकांताची भिरात रिगोवपी (व्यक्ती, वस्त); राकेम; □ वागणें; • **terrorist** (n) हिंसा करून सरकार उडोवक मोदपी व्यक्ती; सांवरो; आकांतवादी; आतंकवादी.

terse (adj) (भाशण) लहान; धोड्या उतरांचें; मुद्दाक धरून केल्लें; अथपथ.

tertian (adj) पयऱ्याचो (जोर वी); • **tertiary** (adj) तिसऱ्या दर्ज्यांचो; तिसऱ्या पांवड्यावयलो.

test (n) परिक्षा; कसवटणी; पारखणी; आलोचन; उजळणी; तपासणी; • (v) कसाक लावप; परिक्षा घेवप.

Testament (n) बायबलाचो करार (पोरणो, नवो); • **testament** (n) मृत्यूपत्र; इत्सापत्र.

testify (v) सोपूत घेवन गवाय दिवप; साक्ष दिवप.

testimonial (n) मनशाच्या सभावगुणांविशीं दाखलो; शिफारस-पत्र; प्रशस्ती-पत्र.

test-tube (n) कंवचेची एके वटेन बंद नळी.

testy (adj) शिघकोपी; जाका रोखडोच राग येता असो; तापट; भिरकेचो.

tetanus (n) धोणकुटी; सांदवाय.

tete-a-tete (n) दोगांभितर खासगत गजाली; असवडीं उलोवप; फुतफुतो.

tether (v) गोरवाक दावें घालप; • (n) दावें वा सांखळ.

text (n) लेखकाचीं तशातशीं उतरां; उतारो; पुस्तकांतलो मुखेल भाग; मूळ ग्रंथ; • **textbook** (n) खासा विशयावयलो ग्रंथ; अभ्यासाचें पुस्तक; पाठ्य-पुस्तक.

textile (adj) लुगट तयार करपासंबंदीत; विणपासंबंदीत; • (n) लुगट; सणंग.

texture (n) लुगटाची वीण; वस्तूची नितळसाण, खरखरसाण; □ घडण.

thank (v) आभार परगटावप; दिनवासप; • **thanks** (n) आभार; आभार मानपाचें उतर; • **thankful** (adj) आभारी; दिनवाशी.

thatch (n) कोलवाचें पांखें; करडान धांपिल्लें पांखें; □ पनेळाचें तोल्द; • (v) कोलवान, करडान शिंवप.

thaw (v) (झेल बी) उदक जावप.

theatre (n) (घो) थिएटर.

theft (n) चोरी.

theism (n) ईश्वरवाद.

theme (n) नाटकाचो बी विशय.

theocracy (n) धर्मगुरुंचें सरकार; धर्मपिठांनी चलयल्लो राज्यकारभार.

theodolite (n) जमनीचे कोनशे मेजपाचें आवत (नकशे करूंक).

theology (n) धर्मशास्त्र; धर्मसिद्धांतांचो अभ्यास.

theorem (n) प्रमेय; तर्कसिद्ध गजाल.

theory (n) सिद्धांत; तत्व; अभ्यास.

theosophy (n) ब्रह्मविद्या; ईश्वराचो साक्षात्कार घडोवन हाडपाचो दावो करपी तत्वज्ञान.

therapeutics (n) चिकित्साविज्ञान; • **therapy** (n) वैजकी उपाय.

therm (n) ताप, हूनसाण मेजपाचें माप; • **thermal** (adj) तापीसंबंदीत; • **thermal spring** (n) हून उदकाचो झरो; • **thermometer** (n) (घो) थर्मोमीटर; जोर कितलो येता तें मेजपाचें साधन; • **thermoflask** (n) थर्मास.

thesaurus (n) समानार्थी उतरां एकठांय दाखोवपी कोश.

thesis (n) खासा करून विद्यापिठाची पदवी बी जोडूंक बरयल्लो प्रबंद.

thick (adj) दाट; आंगान मोटो; गच्च (रुखावळ); दाट (खीर); दाट (संबंद); गुपाट (काळोख); • **thicken** (v) (पातळ पदार्थ) दाट करप, जावप; पातळ वस्तूक दाटाय दिवप; • **thicket** (n) रान; रूख आनी झोपां कुचकुचीत आसतात ती सुवात; • **thickness** (n) मोटाय; दाटाय; घटाय; □ दाटी; • **thick-skinned** (adj) कोडगो; गव्याकातीचो; निगरघट्ट; कितेंय म्हळ्यार लागना असो.

thief (n) चोर; • **thieve** (v) चोरप.

thigh (n) जांग; जांगड; मांडी.

thimble (n) दिदाल; (शिंवतना घालपाचें) बोटा-तोपरें.

thin (adj) पातळ (फोल); विरळ (रुखावळ); किडकिडीत; बारीक, व्हीर कसो मनीस; कल्ल कसो.

thing (n) वस्त; नग; जिनस; □ मुद्दो; विशय; • **things** (n) घडणुको; घटिचार; परिस्थिती; वास्तव.

think (v) चिंतप; विचार करप; येवजप; कल्पना करप; मनाक दिसप; • **thinker** (n) विचारी; विचारवंत; चिंतक.

third-rate (n) उणाक; दर्ज्यान उणो; सकयल्ल्या पांवड्याचो.

thirst (n) तान; पियेवपाची इत्सा; सोंस; हांव; आस; व्हस; • **thirsty (adj)** तानेल्लो; हापापिल्लो.

thistle (n) कांट्यांचें झोप.

thole (n) कलो लावपाचो खूटो (होड्याचे कडेक).

thong (n) चामड्याची वादी (चाबकाची बी).

thorax (n) हड्डे; छाती; गळो आनी पोट हांचे मदलो भाग.

thorn (n) कांटो; • **thorny (adj)** कांट्यांचो; कांटयाळो; अडचणीचो; दगदगाचो.

thorough (adj) पुराय; सगल्या बाटांनी करपाचो; बारिकसाणेचो.

thoroughfare (n) गर्दीचो मुखेल रस्तो.

thought (n) विचार, चिंतन, देवजण; मत; कल्पना; • **thoughtful (adj)** विचारी, चिंतप; • **thoughtless (adj)** अविचारी; चिंतप नाशिल्लो.

thrash (v) बडयेन, दाडान पेटप, बडोवप; चाबकान मारप; (धाडावन) भात मळप; □ जैत जोडप; • **thrash out (v)** वसून चर्चा करून प्रस्न सोडोवप.

thread (n) शिवपेचे सूत; दोरो; धागो; □ आस; □ (बिस्पाची बी) सासळ; □ मळसूरचो गजो; • (v) सुयेंत सूत घालप; • **threadbare (adj)** (कपडो) जिर्णशिर्ण, कुमा सुटिल्लो; पोरणो; बोंदरो; □ घोळयल्लो (चर्चा); □ बासो (विनोद बी); सार ना असो; चोंचो.

threat (n) धैक; धमकी; संकश्ट; □ दबकावणी; □ दुश्चित्र; • **threaten (v)** दबकावप; धैक घालप; भय घालप.

thresh (v) भात मळप (धाडावन वा यंत्रान).

threshold (n) हुंबरो; घरांत, देवळांत भितर सरपाची सुवात; □ आरंभ; सुरवात.

thrift (n) काटकसर; हात राखून खर्च.

thrill (n) (घो) थ्रील; हिसपाभायर आनंद, मौजा; तुतनायक; • **thriller (n)** (सिनेमा, नाटक, कादंबरी वी) मन शिरशिरावपी; हिसपाभायर खोस दिवपी.

thrive (v) जैतवंत जावप; तरतराक, व्हडयिकेक पावप.

throat (n) गळो; ताळो; गची; सकनळी.

throb (v) ठेक्यान चलप; (काळजाचें) धडधडप; खपखपप.

throe (n) खर दुख; (बायटीची) वेण; मरण-वेदना; □ त्रास; कश्ट.

thrombosis (n) रगताची गोठेवणी.

throne (n) शिवासन; राजाचें आसन; □ राजवटकी.

throng (v) एकठांय जमप; हारीन वचप; • **(n)** खेट; घोळको; जमो; पोंवो.

throttle (v) गळो अंदप; घुसमटावप; □ कचप; • **(n)** यंत्राची गती वाडोवपाचो, देंवोवपाची कळ.

through (prep) भितल्ल्यान.

throw (v) उडोवप; शेवटप; मोखप; कितेंय बेगीन करप.

thrust (v) नेटान धुकलप; घुसडप; (सुरो) तोपप; □ लादप; • **(n)** मोहीम; रोख; नेटाची घुगें; □ गती दिवपी धसको; □ तोपून केल्लो घाय.

thud (n) कितेंय घो करून सकयल पडिल्ल्याचो आवाज.

thug (n) भामटो; ठक; गुंड.

thumb (n) आखाणो.

thump (n) मूठ; • **(v)** मूठ मारप; मूठ मारून आवाज काडप.

thunder (n) कुपाचो धडधड; गाज; • **(v)** धडधडप.

Thursday (n) बिरेस्तार.

thwart (v) (येवजण) निर्फळ करप; आडावप; • **(n)** व्हडें ताणपी बसता ती सुवात.

thyme (n) जेवणाखाणांत वापरपाची घमघमाची एक वनस्पत.

tiara (n) पापसायबांचो मुकूट; □ बायलांचो रत्नजडीत मुकूट.

tic (n) तोंडाच्या स्नायूंचें आपसूक आंकडेवप, थरथरप.

tick (v) टिकटिक आवाज जावप (घडयाळीचो बी); टीक करप (✓ अशी कुरू करप); • **(n)** टिकटिक आवाज; टीक (✓ अशी कुरू).

ticket (n) (घो) तिकेट; प्रवासाची, नाटकाची, सिनेमाची बी तिकेट; प्रवेश-पत्रिका; वस्तूचें मोल बरयलां अशें लेबल वा चिटारो; □ येरादारी नेम मोडटल्या वाहन चलयतल्याक पोलीस दितात तो तालांव वा चलन; □ टपाल तिकेट.

tickle (v) आंगार अळंग कितेंय भोंवडावन खातकुतल्यो करप; खातकुतल्यो करून हांसोवप; (खांक येतना गळ्याकडेन) कुचकुचप; (शींक येतना नाकाकडेन) मिरमिरप; □ दुसऱ्याक हांसोवप; खुशाल करप; • **tickler (n)** नाजूक प्रस्न; किचकनडीचो प्रस्न; • **ticklish (adj)** जाका रोखड्योच खातकुतल्यो जातात असो; संवेदनशीळ.

tide (n) दर्याची सुकंती, भरती; □ काळ; वेळ; • **tidal (adj)** भरतेचो; जंय पाणी चडटा असो; • **tidal wave (n)** भरतेचें ल्हार; कसलोय ओग (उमेदीचो, रागाचो बी).

tidings (n) वार्ता; खबर; बातमी.

tidy (adj) निवळ; नितळ; नेटको; मांडणेचो; □ (रक्कम) बरीच मोटी; • **(v)** निटायेर घालप; निवळ करप; साफसूफ करप.

tie (v) दोरयेन, राजवान, सरयेन बी बांदप; गांठ मारून बांदप; बांदपासांत उरप; (वावरांत) बांदून उरप; □ खेळांत बी दोनूय पक्षांक सारकेच गूण मेळप; • **(n)** बांदून दवरपाची वस्त; □ एकवट; बंधन; □ (इश्टागतीचो) बांदपास; □ खेळांत बी दोनूय पक्षांक सारकेच गूण मेळप; □ गळ्याचो टाय; ग्रावात; • **tie up (n)** जोडणी; मेळणी; एकवट; भागीदारी.

tier (n) एका फाटल्यान एक आनी वयर अशा बसकांच्यो रस्ती (थिएटरांतल्यो बी); पंगत; हार; रांक; □ आगगाडयेंतले न्हिदपाचे टियर.

tiff (n) ल्हान झगडें; तंटो; वितंडवाद.

tiffin (n) दनपारचें खाण-जेवण (तत्पुरतें); वावराक वतल्याची भुती.

tiger (n) वाग; • **tigerish (adj)** वागाभाशेन क्रूर; • **tigress (n)** वागीण.

tight (adj) (मारिल्लें धांपणें) घट्ट; (मारिल्ली गांठ) घट्ट; □ दामून चेपून भरिल्लो; ताणून धरिल्लो; (आंगाचें) चप्प; (सोरो चड पियेल्ल्यान) तर्र; (दुडवांची परिस्थिती) कठीण; □ हिमटो; • **tighten (v)** घट्ट, तायट करप; घट्ट जावप; आंवळप; ताणप (ओडून धरप).

tile (n) नळो; तिजुलो; • **tile piece (n)** नळकुटी.

till (n) दुकानावयलो गल्लो दवरपाचो खण; पेटूल; • **(v)** जोत घालप, कसप; जमनीची कमावीस करप; • **(prep; conj)** पर्यान; मेरेन; • **tiller (n)** शेतकार; जोतकशी; भूंय कसपी; □ सुकाण्याचो दांडो; • **tiller's planer (n)** तास.

tilt (v) पालसो करप; लकप; लकोवप; बाग घेवप; बागोवप; उलोवपा-बरपांतल्यान उजरावन काडप; • **(n)** पालसण; बाग;

घसारी.

timber (n) बांदावळीचें मदेर, लाकूड; □ मदेराचे रूख.

time (n) (वर्स, मिन्टां बी) वेळ; (पुर्विल्लो, अर्विल्लो) काळ; (घडणुकेचो वेळ) वगत; (वावरूक लागता तो) वेळ; समय; फुरसत; खीण; फावट; उसरपत; • (v) वेळ मेजप; संद धरप; वेळांत बसोवप; • **timekeeper (n)** सारको वेळ दाखोवपी घड्याळ; □ कामगाराच्या कामाच्या वगाची बी नोंद दवरपी अधिकारी; □ हाजिरी वगोवपी; • **timely (adj)** फावो तेन्नाचो; जिस्त जाय त्या वेळाचयलो; • **timepiece (n)** घड्याळ; • **timetable (n)** (घो) टायम-टेबल; वेळा-तकटो.

timid (adj) भिजूड; भेकरो; भुजगो; हुलके-काळजाचो.

tin (n) कलय; तर्वार; पत्रो; □ फोलीण; लात; कलय काडिल्लो डबो वा आयदन; • (v) कलय काडप; लातात, फोलिणांत भरप (हवाबद करप); • **tin foil (n)** बेगड; • **tin-opener (n)** (घो) टीन ओपनर; हवाबद फोलीण उकते करपाची चावी; • **tinplate (n)** पत्रो.

tinder (n) सोंपेपणीं पेट घेता अशो जिनस (पत्रो, कापूस, सुको जळव बी); गधक; • **tinder box (n)** चकमकीची डबी; चकमक.

tinge (v) कितेंय कणभर, कूसभर घालून रंग, रूच बदलप; नवो रंग, रूच दिवप; • **(n)** कण; सया; नवें रंग-रूप.

tingle (v) जाळ पडप; शिरशिरप; चुरचुरप; □ मुयेवप.

tinker (n) दागदारार भोंवून आयदनां पासपी, कलय काडपी; □ कांसार.

tinkle (v) घांटीचें किणकिणप; • **(n)** किणकीण आवाज (घांटीचो, घागऱ्यांचो).

tinsel (n) बेगड; चकचकपी फोली, पट्ट्यो बी; कितेंय चकचकपी, बेगडी, नकली; □ खोटें जर.

tint (n) रंगाची सया.

tiny (adj) सामको लहान; कुकुलो.

tip (n) तोंक; पोंत; □ (घो) टीप; आलबीस; □ उश्टेवारो; □ सुचोवणी; सुलूम; • **(adj)** तोंकाचो; पोंताचो; • **(v)** कुशीक लंवडप; उमथावन रितो करप; राशीर मारप; □ तोंक लावप.

tipple (v) (सोगे बी) पयपत पियेवप.

tipsy (adj) पियेवन तर्र जाल्लो; सुरांटो; बेबदो.

tiptoe (n) पांयांबोटाचें तोंक; • **(v)** (आवाज करिनासतना) पांयांबोटांचेर चलप.

tiptop (adj) चक्क; टक्क; □ बेस बरो.

tirade (n) गाळींचो शिवर; टिकेचो, निर्भत्सनेचो मारो.

tire (v) खरशेवप; पुरो जावप; नाका जावप, दिसप; वाज येवप; • **(n)** चक्राची धांव; • **tired (adj)** जाका पुरो जाल्लां असो; जाका विसव जाय असो; खरशेल्लो; बेजार जाल्लो; खडपमूक जाल्लो; • **tireless (adj)** जो थकना असो; जाका पुरो म्हणून जायना असो; जो खरशेना असो; अथक; खडपमूक जायना असो; • **tiresome (adj)** दुसऱ्याक पुरो करपो; बेजार करपी; उबगण हाडपी; □ किटकिटीचो; पनवत.

tiro, tyro (n) अणभव नाशिल्लो मनीस; नवखो; नवशिको; उमेदवार.

tissue (n) विणिल्लें वा जाळयेचें लुगट; □ कुडींतल्या पेशींचो पुंजो; □ जाळें; • **tissue paper (n)** (घो) टिशू पेपर; पातळ फोल.

titan (n) म्हान; (बुद्दीन, बळान)

सगल्यांपरस व्हड; □ सूर्य; □ राकेस; • **titanic (adj)** आकांताचे (प्रयत्न); सगलें बळ लावन केल्लो (वावर).

titillate (v) खातकुतल्यो करप.

title (n) नांव; बिरूद; □ मुकूट.

toad (n) माणको; बेबो.

toast (n) ऊंड्याची, पावाची फाती; • **(v)** फाती भाजप; तळसप; □ दुसऱ्याक भलायकी, येस बी मागून सोऱ्या-पेलो तोंडाक लावप; टोस्ट करप.

tobacco (n) तंबाखू; धुंगटी.

today (n & adv) आयज; आज.

toddle (v) भुरग्याभाशेन लकलकत चलप.

toddy (n) ताडी; निरो; सूर; • **toddy-tapper (n)** रेंदेर; • **toddying (n)** सूरस्तळाक लावप.

toe (n) पांयांचो आखाणो; • **(v)** पांयाचो आखाणो लावप.

toffee (n) (घो) टॉफी; चॉकलेट; ल्हान गोड काप.

together (adv) सांगातान; वांगडा; सगल्यांनी मेळून; एकाच वेळार.

toil (v) खूब कश्ट काडप; तकालस घेवप; अडचणींतल्यान वाट काडप; • **(n)** कश्टांचो वावर; घामाचो वावर.

toilet (n) (घो) टॉयलेट; न्हावपा-धुवपाची, प्रसाधनाची कूड; मात्रें; □ संडास; पायखिळो.

token (n) कुरू; कुरवेचो बिल्लो; तगड; चित्र; प्रतीक; खुमा.

tolerable (adj) सोंसूंक जायत अशें; मान्य करीसारकें; चलता अशें; • **tolerance (n)** सोंशीकपण; सोंसणिकाय; • **tolerant (adj)** सोंशीक; सोंसणिकायेचो; व्हड मनाचो.

toll (n) घांट; घंटानाद; □ पूल बालांडटना फारीक करचेली पटी; □ लुसकान; • **(v)** टणटण असो घांटीचो एके लयेन आवाज येवप (गांवांत मरण जालां हाची इशारत); सवकास घांट वाजोवप.

tomato (n) तोंमात; टमाट.

tomb (n) थडें; कबर; प्रेत पुरचेली सुवात; • **tombstone (n)** यादस्तिका-फातर.

tomboy (n) चल्याच्या आंगलोटाचें (आवतोराचें) चली.

tome (n) ग्रंथ; मोटें पुस्तक.

tomfoolery (n) सामकीं पिशेपणां.

tomorrow (n) फालें; मुखावयलो दीस; • **(adv)** फाल्यां.

ton (n) (घो) टन; एक हजार किलो वजन.

tone (n) ध्वनी; स्वर; वाद्याचो सूर, आवाज; □ रंगाची सया; □ एकंदर स्थिती; • **(v)** खाशेलो रंग वा ध्वनी दिवप; रंग जुळप, जुळोवप.

tongs (n) चिमटो (कितेंय उबारपाचो).

tongue (n) जीब; □ भास; बोली; उतर; □ जिबेच्या आकाराची वस्त (पांयांक बूट घालूंक उपकरायतात तसली); • **tongue cleaner (n)** (जिबेचें) वेळ.

tonic (n) (घो) टॉनीक; शक्तीवर्धक; घटाय दिवपी वखद.

tonight (adv) आज रातीक; रातचो.

tonnage (n) वाहनाची म्हाल ओडपाची तांक; दर टनाफाटल्यान भाडें.

tonsil (n) (घो) टॉन्सील; गालगूट; • **tonsillitis (n)** वाडिल्लीं गालगुटां.

tonsure (n) माथ्याचें मुंडण.

tool (n) (हातांनी वापरपाचें) आवत.

tooth (n) दांत; □ यंत्राचो दांतरो; • **toothache (n)** दांत-दुखी; दाड फोडप, उसळप.

top (n) माथो; तेमूक; वयलो, ऊंचलो भाग; कुचो; • **(adj)** म्हत्वाचो; वयलो;

वयल्या क्रमाचो; • (v) वयर येवप; वयलो क्रम घेवप.

topaz (n) एक हळदुवो खडो (मोलादीक रत्न); पुष्कराज.

topic (n) चर्चेचो विशय; • **topical** (adj) चालंत.

topography (n) प्रदेशाची घडण, रचना; थळवर्णन; थळाची विशेशताय.

topology (n) वाटारविद्या.

topple (v) कोमळप; उमथी पडप; लंवडून पडप.

topsy-turvy (adj) उफाटो; उमथो; आगतो-पगतो; तकलो मकयल्न पांय वयर.

torch (n) जोत; दिवटी; चूड; उजवाडी; □ बॅटरी दिवो.

torment (v) खूब त्रास, कश्ट दिवप; उबगण हाडप.

tornado (n) भयाकूत मोड; वावाच्यो वाटोळ्यो.

torpedo (n) (घो) टॉरपेडो; पाण्मशीन.

torpid (adj) जड आनी सुस्त; मंगो.

torpor (n) जडाय, सुस्ती, आळसाय

torrent (n) उदकाचो लोट; झोत; हवार; उदगार; • **torrential** (adj) (पावस) पोण्यांचो; उदंगारांचो.

torrid (adj) रखरखीत; हूर; उश्ण.

torsion (n) एक पांत घट्ट धरून दुसऱ्या पांतार दिल्लो पीळ.

torso (n) हात आनी तकलो नाशिल्ले धड (पुतळ्याचें); तुंड.

tortoise (n) कासव; कासव.

tortuous (adj) (वाट) वाकडी-तिकडी; मोडणां-मोडणांची; □ (राजकारण) किचकनडीचें; □ तड्डकी.

torture (v) हालहाल करप; वळवळायप; छळ करप; • (n) हाल; वळवळे; छळ.

toss (v) (घो) टॉस; वयर उडोवप; शेवटप; मोखप; □ नाणें वयर उडोवन निर्णय घेवप (कुरू काय बावलो?); फाटी-फुडें पासयो मारीत रावप; • (n) ओली-सुकी; कुरू-बावलो.

tot (n) साप लहान भुरगें; भुरगुलें; □ सोन्याचो लहान पेलो, घोंट.

total (n) पुरायं, सगली रकम; बेरीज; जमा; • (adj) पुरायं; पूर्ण; वट्ट; एकादर; सारें-पुरें; आखणो; • (v) बेरीज करप, जावप; • **totality** (n) पुरायपण; पूर्णत्व; • **totalitarian** (adj) एकाच पक्षाचो (राजकारभार); जंय दुसऱ्या पक्षाक, पंगडाक सुवात ना असो; सगली सत्ता एकाच पक्षाकडेन अशी (राजवट).

totter (v) कडकडत, लकलकत चलप; थरथरप; पडपाकडेन पावप.

touch (v) आफडप; स्पर्श करप; हात-बोट लावप; संबंद आमप; काकूट करप; बगावंगी करप; • (n) स्पर्श; आफड; संबंद; भावना; इल्लें प्रमाण; □ करामत; कला; • **touch at** (v) थकयाक लागप; • **touch down** (v) (विमान) धांवेर, पट्टेर देंवप; • **touch on** (v) विशय थोड्या उतरांनी मागप; उडटे सांगप; विशयाक मातमो स्पर्श करप; • **touch up** (v) (अदीक बरो जावक वस्तूचेर) हात भोंवडावप; सरी करप; सुधारणा करप; • **touchstone** (n) कसवटणेचो फातर; कस; परिक्षा; • **touchy** (adj) मनाचो गळागळो; हळवो; मनाक लावन घेवपी; रोखडोच तापपी; भावनाप्रधान.

tough (adj) घट; अवघड; वातड; सोंपेपणीं पिंजूक, मोडूंक, फोडूंक कठीण असो; □ वळिश्ट (मनीस); कठीण (गणीत); दगदगाचें (काम); • **toughen** (v) अदीक घट जावप, कडकपणान वागप.

tour (n) भोंवडी; यात्रा; प्रवास; पयण;

• (v) भोंवडेर, प्रवासाक, यात्रेक वचप; • **tourist (n)** (घो) टुरिस्ट; पर्यटक; यात्रिक; भोंवडेकार; पयणारी; • **tourism (n)** पर्यटण; भोंवडी; वेगळीं-वेगळीं थळां पळोवंक प्रवास.

tournament (n) (घो) टुर्नामेंट; खेळांची सर्त, स्पर्धा; वस्तादपण.

tourniquet (n) शिरेचें व्हांवतें रगत थांबोवंक केल्लो उपाय.

tousle (v) माथ्यार हात भोंवडावन केंस विसकटावप; कितेंय आरतें-परतें उडोवप.

tout (n) भोंवडेकाराक गांठून ताका गुप्तीं जाय तें दिवपी; दलाल; मदेस्त.

tow (v) राजवान, सांखळेन उदकांतलें तारूं ओडप; एका वाहनान दुसरें वाहन ओडून व्हरप; तारूं सांगाताक ओडून व्हरप; रांपण, जाळें ओडप; • **(n)** तारूं ओडपाचो राजू; आंजो; • **tow-beat (n)** व्हडल्या तारवाक ओडून व्हरपी होडें.

towel (n) आंग पुसपाचें लुगट वा कागद; तुवालो; वालो; • मेजावयलो चादर.

tower (n) (घो) टॉवर; ऊंचाट; कळस; घुमटी; घूड; • **(v)** ऊंच वचप, जावप; व्हड आसप, जावप; • **towering (adj)** सामको ऊंच; सगल्यांपरस व्हड; उत्तुंग (व्यक्तित्व); दिग्ग; • **tower of strength (n)** धिराची व्यक्ती; काळजान धीट अशी व्यक्ती; जिचे ठांय बळ एकवटलां अशी व्यक्ती.

town (n) ल्हान शार; व्हड गांव; नगर; नगरवासी; • **townee (n)** नगरांत रावपी मनीस; शारी बाबू; • **town hall (n)** (घो) टावन हॉल; नगरपालिका हॉल; नगरांतलो भौशीक हॉल; नगरांतली सरकारी कचेऱ्यांची इमारत.

toxaemia (n) विखाचे बादेक लागून जाल्लो रक्तदोश; • **toxic (adj)** विखाळो; • **toxin (n)** कुडींत निर्माण जाल्लें सेंद्रीय वीख.

toy (n) भुरग्यांचें खेळणें; • **(v)** खेळप; मौजा करप.

trace (n) खुणा; चित्र; छाप; प्रमाण; माग; अवशेष; ओळ; सुलूस; • **(v)** चित्राचेर फोल दवरून चित्र काडप; □ मागार रावन धरप; सोदून काडप.

trachea (n) सकनळी; गळो; गळ्याची नळी.

track (n) घोळिल्लो मार्ग.

tract (n) भुंयेचो कुडको; □ धर्मीक विशयाचेर छापिल्लो लहान ग्रंथ वा पुस्तक; □ कितेंय वचपाची वाट, नळी, पाट; • **tractable (adj)** सोंपेपणीं आटापूं येत असो; नळयेंतल्यान, पाटांतल्यान वचत असो.

traction (n) ओडपाची शक्त, क्रिया; • **tractor (n)** (घो) ट्रॅक्टर; शेतकामाचें यंत्र ओडपी वाहन; चक्रां आशिल्ली वस्त ओडपी वाहन.

trade (n) व्यापार; वेवसाय; धंदो; खरेदी-विक्री; • **(v)** व्यापार करप; (म्हाल) विकतो घेवप, विकप; अदलाबदल करप; • **trade mark, trade name (n)** (घो) ट्रेड मार्क; कंपनीचें, कंपनीच्या म्हालाचें नोंद केल्लें (रजिस्टर्ड) नांव; • **trader (n)** व्यापारी; खरेदी-विक्रीचो व्याप करपी व्यक्ती वा कंपनी; • **trade union (n)** व्यापार-धंद्यांतल्या कामगारांचो हक मेळोवपापसत घडिल्लो एकवट; कामगार-संघटना.

tradition (n) चलत आयिल्ल्यो रिती-रविसो, चाली, नेम, परंपरा.

traduce (v) निंदप; दुसऱ्याचें नांव इबाडप.

traffic (n) येरादारी (मार्गावयली, उदकांतली, अंतराळांतली); (घुंवळे-वखदांचो बी) चोर-व्यापार.

tragedy (n) दुखेस्त घडणूक; □ अरिश्ट; व्हड संकश्ट; □ दुखी घडणुकांनी सोंपिल्ली कथा, नाटक बी; □ विदर्णा; • **tragic (adj)** चड दुखदिर्णे; चुरचुऱ्यांचें (मरण बी); विदर्णाचें.

trail (n) फाटल्यान ओडत वचपी वस्त; फाटल्यान उरिल्ली वा सोडिल्ली कुरू, खुणा; □ खडबडीत वाट; रानांतली वाट; • **(v)** माग धरून वचप; फाटल्यान वचप, उरप; सवकास वचप; • **trailer (n)** वाहनाक जोडिल्ली सामानाची बी गाडी; □ मुखेल सिनेमाची जायरात करपी, झळक दाखोवपी लहान फिल्म.

train (n) (घो) ट्रेन; रेलगाडी; गाडी; □ एका फाटल्यान एक जोडिल्ल्यो वस्तू, घडणुको; रांक; • **(v)** खाशेल्या विशयाचें शिक्षण दिवन तयार करप; प्रशिक्षण दिवप; □ मोख धरप; • **trainee (n)** प्रशिक्षणार्थी; वेवसायांत कुशळताय मेळोवंक शिकपी व्यक्ती (नोकरी करता थंयच); • **trainer (n)** प्रशिक्षक; खेळगाड्यांक शिकोवपी; □ मुण्याक, घोड्यांक शिकोवन तयार करपी; □ शिकवणीचें विमान.

trait (n) लक्षण; सभावगुण; □ दोश.

traitor (n) घातमारो; देसघातकी; • **traitress (n)** देसघातकी (बायलमनीस).

trajectory (n) वाट; तुबकांतल्यान, नाळींतल्यान सुटिल्ले गुळयेची, गुल्ल्याची वाट; गतीमार्ग.

tram (n) ट्राम; बिजलेर चलपी मार्गावयलें भौशीक वाहन.

trammel (v) जाळ्यांत घुसपावप; हालूंक-धोलूंक जायना अशें करप; चरांटून बांदप; हालचाल कठीण करप.

tramp (v) पांयांनी वाट मस्तीत चलप; पांय आपटीत चलप; • **(n)** चलपाचो धबधब आवाज; □ घरदार नाशिल्लो रस्ताद मनीस.

trample (v) पांयांनी मस्तप, चिड्डप.

trance (n) तनरी; समाधी-स्थिती.

tranquil (adj) थंड; शांत; सस्त; थीर; • **tranquillity (n)** शांतताय; सस्तताय; मनाची थिराय; • **tranquillizer (n)** शांत करपी, सस्तताय दिवपी वखद, उपाय.

trans (prep) पलतडी; दुसरे तडीक.

transact (v) (व्यापार-वेव्हार) करप, चलोवप; • **transaction (n)** पुराय केल्लो वेव्हार; वेव्हार, व्यापारांतली एक उलाढाल.

transatlantic (adj) अॅटलांटिका पलतडचो.

transcend (v) (एकादे गजाली परस) वयर वचप; वरतो जावप, आसप; हुपप; • **transcendent (adj)** श्रेश्ठ; उत्कृश्ट; • **transcendental (adj)** सामान्यांच्या समजापेलें; अणभवापेलें; वरतें.

transcribe (v) एके फोलीवयलें दुसरे फोलींर उतरावप, छापप; लिप्यंतर करप; तालीक काडप; नोंद करप; प्रत करप; तयार करप; • **transcript (n)** तालीक; प्रतीलिपी; कॉपी.

transfer (v) बदली करप; सुवात बदलप; (आपलें कितेंय) दुसऱ्याच्या नांवार करप; दुसऱ्याच्या खात्यार बरोवप; दुसऱ्याक दिवप; (कागदावयलें लुगटाचेर) उतरावप; सुवादीन करप; • **(n)** बदली.

transfigure (v) दुसरें रूप घेवप; सया बदलप; बदल करप.

transform (v) आकार, रूप, गूण बी बदलप; बदल घडोवन हाडप; रचणुकेंत बदल करप; मानसीक बदल घडप; • **transformation (n)** बदल, बदलाची प्रक्रिया (उदकाचें बर्फ जावप बी); • **transformer (n)** (घो) ट्रांसफॉर्मर;

विजेची वोल्टेज बदलपी ल्हान उपकरण.

transfuse (v) (रगत) एके कुडीचें दुसरे कुडीक दिवप; दुसऱ्या आयदनांत ओतप; • **transfusion (n)** रक्तदान; एकल्याचें रगत दुसऱ्याक दिवप.

transgress (v) (शीम) हुपप; कायदो मोडून दुसऱ्याचे सुवातेंत वचप; अतिक्रमण करप; कायदो मोडप; गुन्याव, पातक करप; मर्याद सोडप.

tranship, transship (v) एका तारवांतलें (वा गाडयेंतलें) दुसऱ्या तारवार बी चडोवप; तारूं वा गाडी बदलप.

transient (adj) अल्पजिवी; तत्पुरतो; सदांकाळाखातीर न्हय असो; थोड्या दिसांपुरतो; खिणयाळो.

transistor (n) (घो) ट्रांझिस्टर.

transit (n) म्हाल, प्रवासी हांची हाड-व्हर; येरादारी; संक्रमण.

transition (n) संक्रमण; परिस्थितींत, सुवातेंत बी बदल.

transitive (adj) बदलामदलो (काळ); सकर्मक (क्रियापद).

transitory (adj) तत्पुरतो; खिणयाळो; थोड्या काळापुरतो.

translate (v) अणकारप; अणकार करप; अर्थ स्पश्ट करप; अर्थ सांगप; □ कृतींत हाडप; • **translation (n)** अणकार; भाशांतर; • **translator (n)** अणकारपी; भाशांतर करपी; अनुवादक.

transliteration (n) लिप्यंतर; दुसरे लिपयेंत उतरावप; अक्षरांतरण.

translucent (adj) अल्पपारदर्शक.

transmit (n) सांगप; कळोवप; पावोवप; धाडप; दिवप; वितरावप; दुसऱ्या सुवादीन करप; पातळावप; (पिडा-रोग) दुसऱ्याक दिवप; • **transmitter (n)** प्रक्षेपक.

transmute (v) रूप बदलप; काया बदलप; पुराय रुपांतर करप.

transparent (adj) आरपार दिसपी; हारशांतल्यान बी दुसरी वट दाखोवपी; □ निर्मळ; दाखय-लिपय नाशिल्लो.

transpire (v) (गुपीत) उकताडा येवप; सगल्यांक कळप; घडप; जावप; □ घाम येवप, काडप.

transplant (v) शेतांत नाट लावप; गार्फ लावप; एकेकडचें काडून दुसरेकडेन लावप; एका मनशाचो वा जनावराचो अवयव शस्त्रक्रियेवरवीं दुसऱ्याक घालप.

transport (v) एकेकडल्यान दुसरेकडेन व्हरप; म्हाल वा प्रवाशांची हाड-व्हर करप; • **(n)** (घो) ट्रान्स्पोर्ट; वाहतूक, येरादारी; वाहन.

transpose (v) सुवात बदलप; दुसऱ्याचे सुवातेर कितेंय दवरप; क्रम बदलप.

transverse (adj) आडवो; पालसो; बागवल्लो; वांकडो.

trap (n) पांदरो; सांपळो; रातेर; जाळें; □ मांडणी; □ दोन चक्रांची ल्हान घोड्यांगाडी; • **(v)** पांदऱ्यांत धरप; सांपडावप; □ सांपडप; आडखळून उरप; गुन्यावगाराक गुन्याव करतना हिकमतीन धरप; • **trapdoor (n)** तळघरांत वा माळ्यार वचपाचें चोर-दार; • **trapper (n)** (चामड्याखातीर) सावदांक पांदऱ्यांनी धरपी मनीस.

trapeze (n) कसरतीची हुमकळायल्ली आडवी दांडी.

trapezium (n) दोन वटो समांतर आशिल्लो चौकोन.

trapper (n) रानसावदांक धरपी; कासादोर.

trappings (n) समारंभाचीं न्हेसणां; साजशृंगाराचें सामान.

trash (n) कोयर; कोयरा-मोलाचें साहित्य; जाका मोल ना अशें कितेंय.

trauma (n) मनाक बशिल्लो धसको; उडिल्लो आवरो; □ घाय; जखम.

travail (n) चड कश्ट; पिडा दिवपी दूख; वेणो; • (v) वेणो येवप; चड कश्ट जावप.

travel (v) प्रवास करप; यात्रेक, भोंवडेक वचप; • (n) प्रवास; पर्यटन; यात्रा; भोंवडी; पयण; • **traveller** (n) प्रवासी; पर्यटक; यात्रिक; भोंवडेकार; पयणारी; • **travelogue** (n) प्रवासाचेर भाशणा, लेख बी; प्रवास-वर्णन; • **travel agency** (n) प्रवास कंपनी; यात्रा कंपनी.

traverse (v) हुपप; बालांडप; • (n) उब्या दोगरार चडपाची वाकडी-तिकडी चडटी.

travesty (n) विदर्णा; केलदावणी; क्रूर फकाणा, मस्करी; • (v) विदर्णा, विटबना करप.

trawl (n) व्हडलें जाळें; • (v) दर्यांत नुस्तें पागप; • **trawler** (n) (घो) ट्रॉलर; नुसतें धरपाची बोट.

tray (n) (घो) ट्रे; चिक्रा, कपा हाड-व्हर करपाची ताटली, तठल.

treacherous (adj) घातमारो; विस्वासघातकी; दगलबाज; बिनभरवशाचो; • **treachery** (n) विस्वासघात; कपट; दगलबाजी.

treacle (n) काकय.

tread (v) पांयांनी मस्तप; पांयांनी चलप; रस्तो माड्डप; हेडप; • (n) पांयाचो आवाज; पाय दवरतात तें सपण; □ टायराचे कातरे आसतात तो भाग (जमनीक तेकता तो); • **treadle** (n) यत्राचें पेंडल (जें पांयानी दामतकूच यंत्र चलता).

treason (n) देसघात; देशद्रोह; आपल्या देसाआड फितुरी.

treasure (n) (मोलादीक वस्तींचें) भांडार; दस्तन; खजिनो; ठेवो; □ सांबाळून दवरपाची वस्त, गजाल बी; • (v) सुगूर दवरप; मोलादीक वस्त कशी सांबाळप; • **treasurer** (n) (संस्थेचो बी) भाडारी; खजिनदार; • **treasury** (n) तिजोरी; □ सरकारी दुडवां-कोठी; सरकारी दुडवां-वेव्हाराचें खातें; □ साहित्याचो ठेवो, भांडार बी.

treat (v) वागोवप; वागणूक दिवप; मतीत घेवप; वेव्हार करप; विशय हाताळप; वखद करप; • (n) पार्टी; जेवण (पक्वान्नाचें); □ मौज; खोस; • **treatment** (n) वागणूक; □ पावणार; □ वैजकी उपचार.

treatise (n) एकादऱ्या विशयाचेर बरयल्लो प्रबंद.

treaty (n) राष्ट्रा-राष्ट्रामजगतचो करार, थारावणी; शांततायेचो, व्यापाराचो बी करार, कबलात; □ समेट; झुजबंदीची कबलात.

treble (v) तिपटीन करप, (adj) तीन पट; तिप्पट; • (n) संगितातलो सगल्यात ऊंचेलो स्वर.

tree (n) झाड; रूख.

trek (n) लांब पल्ल्याचो प्रवास; कश्टांचो प्रवास.

trellis (n) लाकडी कांबटाची जाळी (रोयिल्ली वाल बळावची, मांडची म्हणून केल्ली).

tremble (v) (भयान, रागान, शिंयान बी) कडकडप; कुडकुडप; थरथरप; कांपेरो सुटप.

tremendous (adj) चड मोटो; खूब व्हड; आकांताचो; खडेगांठ; • **tremendous force** (n) बारा भुजाचे बळ.

tremor (n) थरथर; कांपेरो; हादरो (भुयकापाक लागून); • **tremulous** (adj) (हात, आवाज बी) कडकडपी;

भियेल्लो; कांचवेल्लो.

trench (n) चर; नेम; खंदक; खळी.

trenchant (adj) स्पश्ट (भास); कडक; लागसारकी; परिणाम करसारकी.

trend (n) प्रवृत्ती; कल; दिशा; रीत; पद्दत; • **trend-setter (n)** नवी चाल, रीत सुरू करपी; • **trendy (adj)** नव्या चालीं-रितींचो.

trepidation (n) थरथरो; कांपेरो; धास्ती; भयाभीत अवस्था.

trespass (v) अधिकाराविणें दुसऱ्याचे सुवातेर वचप; कायदो मोडप; अतिक्रमण करप; • **(n)** अतिक्रमण; कायद्याआड प्रवेश; आगळीक.

tress (n) पामटी; विणी; वेंटो.

trestle (n) लाकडी तिकटें; घोडो.

trial (n) तपासणी; परिक्षा; पळोवणी; चांचणी; पारखण; □ कोर्टांतलो खटलो; □ संकश्ट; सत्वपरिक्षा; कसवटणी; • **trial balance (n)** तेरीज (हिसबाची).

triangle (n) त्रिकोन; त्रिभूज; □ तिकटें.

trialogue (n) तिगांमजगतीं संवाद, गजाली.

tribe (n) आदिवासी; वनवासी जमातीचें वर्ग्ण, कूळ, वंश; • **tribesman (n)** आदिवासी मनीस; रानांनी वसती करून रावपी लोक.

tribulation (n) इपदा; कश्ट; व्हड संकश्ट; दुखव; कर्मभोग.

tribunal (n) (घो) ट्रायब्युनल; कोर्ट; त्रिबुनाल; न्यायमंदिर; खाशेल्या कामापासत नेमिल्लो न्यायाधीश (एक वा चड).

tribune (n) मंच; माची.

tributary (n) व्हडले न्हंयक मेळपी ल्हान न्हंय; □ मांडलीक; खंड भरपी.

tribute (n) खंड; □ भेटवण; उपहार; नजराणो; □ प्रशंसा; □ श्रद्धांजली; अर्गां; □ संकेत.

trice (adv) in a trice खिणांत; घटकेन; हां हां म्हणटना; झटपट; • **(v)** राजवान ओडून बांदप.

tricentenary (n) त्रिशताब्दी; तीन शेंकडे जाल्ल्याचो सुवाळो.

trick (n) (घो) ट्रीक; हिकमत; युक्ती; मांडणी; □ कपट; □ घटी; चलाखी; • **(v)** तड्डक करप; □ फटोवप; नाडप; □ चलाखी करप; • **trickery (n)** ठकबाजी; दगलबाजी; • **trickster (n)** हातचलाखी करपी; □ नाडगो; फटींग.

trickle (v) बारीक धार लागप; गळटी लागप; व्हांवप; पातेवप; झिरपप; • **(n)** बारीक धार.

trident (n) त्रिशूळ.

tried (adj) भरवंशाचो; खात्रीचो; पारखिल्लो.

triennial (adj) तिसालाचो; तीन वर्सांनी येवपी; तीन वर्सां चलपी.

trifle (n) किरकोळ गजाल; मोल, म्हत्व नाशिल्ली वस्त, गजाल बी; बारीक (रक्कम), कसपट, चिल्लर; • **(v)** किरकोळावप; तुच्छ लेखप.

trigger (n) तुबकाचो, आर्माचो घोडो (चाप); कळ; □ अशें कितेंय जें क्रिया प्रतिक्रिया सुरू करता तें; • **trigger off (v)** (कितेंय घडूंक) सुरू जावप.

trigonometry (n) त्रिकोणासंबंदीत शास्त्र.

trill (n) थरथरो आवाज; आवाजांतलो कांपेरो; ताळ्या-कांप; □ गायतना कांपरो आवाज काडप.

trilogy (n) एकाच विशयाचेर बरयल्ल्या तीन नाटकांचो, कथांचो, गितांचो बी झेलो.

trim (adj) निवळ; नेटको; टक्क; ठाकठीक; □ कडांचीं कुसां बी कातरून

निवळ केला असो; □ बोडकायल्लो, बेणायल्लो रूख.

trimester (n) तीन म्हयन्यांचो अभ्यासाचो काळ.

trinity (n) त्रिमूर्ती; तिगांचो पंगड; □ (क्रिस्तांव धर्मांत) बाप, पुत्र आनी पवित्र आत्मो.

trinket (n) लहान वस्त; सोबेचो नग (व्हर्डेलेंशें मोल नाशिल्लो).

trio (n) तिकूट; तिगां गावप्यांचो, वाजोवप्यांचो पंगड.

trip (n) (घो) ट्रीप; लहान भोंवडी; पिकनीक; पासय; फावट; खेप; □ घुसपण; उलयतना जाल्ली चूक; • **(v)** पायांत पांय घुसपून पडप; घुसपावन उडोवप; कित्याकूय आडखळून पडप; उडोवप; निसरप.

tripartite (adj) तिगांचीं; तीन पक्षांचीं (उलोवणीं वी).

triple (adj) तीन खणांचो; तिगांचो संबंद आशिल्लो; तीन पटींचो; • **(n)** तिनाचो सट; • **(v)** तिनांनी गुणप; • **triplicate (adj)** तीन भागांचो; तिनांनी गुणिल्लो, गुणपाचो; • **(n)** तीन वस्तूंचो पुंजो.

triplet (n) तिळ्यांतलें एक; एक फावट जाल्ल्या तीन भुरग्यांतलें एक; तिगांचो पंगड.

tripod (n) तीन पांयाची चवाय.

trisect (v) सारके तीन वांटे करप.

trite (adj) वापरून घोळिल्लो; जाची ताजपाण गेल्या असो; आयकून-आयकून पोरणो जाल्लो.

triumph (n) जैत; येस; विजय; □ जैताची, येसाची खोस; • **(v)** जैत, येस जोडप; जैताची खोस परगटावप.

triumvirate (n) तिगांनी चलयल्ली राजवट; त्रिकूट; तिगांचो गट.

trivia (n) किरकोळ, म्हत्व नाशिल्ल्यो गजाली; • **trivial (adj)** किरकोळ; कुसकूट मोलाच्यो; म्हत्व नाशिल्ल्यो; क्षुद्र; उथळ; गंभीरताय नाशिल्ल्यो.

troll (v) मेकळेपणान गावप; (होड्यांतल्यान बी) तुस्तें गरोवप.

trolly, trolley (n) (घो) ट्रॉली; हातगाडी; लाडीस; □ विमानतळार, वस्तू-भांडारांनी सामान घालूंक वापरतात ती हातगाडी; हॉस्पिटलांत खाण-जेवण वरूंक वापरतात ती हातगाडी.

trombone (n) तोंडान वाजोवपाचें वाद्य; शींग.

troop (n) लोकाचो जमो, पोंवो; पुंजुलो; फुडें सरपी गर्दी; • **(v)** पुंजुल्यान फुडें सरप; पोंव्यान वचप, प्रवेश करप; • **troops (n)** सैन्यांतले, फौजेंतले शिपाय.

trophy (n) (घो) ट्रॉफी; खेळांतल्या जैतवतांक तसरीप म्हणून दिल्ली वस्त; करण; □ सांबाळून दवरपासारकी जैतांत जोडिल्ली वस्त.

tropic (n) विषुव वृत्ताच्या समांतर लागींचो प्रदेश; • **tropical (adj)** सामको उश्ण (प्रदेश).

trot (v) भुरग्यासारकें तुटुतुटु चलप, धांवप; मनशाचें लहान पावलां घालीत तुरतुरीत चलप; □ घोड्याचें सवकास धांवप.

trouble (n) श्रम; तकस; तकालस; □ चिंता; हुसको; □ असंतोस; □ पिडेक लागून जावपी दूख, बादा; □ दुखखाचें, हुसक्याचें कारण; □ तंद्रे; दगदग; किचकचड; गिरगिरें; लंगाट; • **(v)** सतावप; पिडा दिवप; तकालस घेवप; तिडावप; हुसको काडप; • **trouble-shooter (n)** झगडें, किजील, वितुश्ट पालोवपी; प्रस्न मेटोवपी; • **troublesome (adj)** त्रास, दगदग दिवपी; किटकिटीचो, गिरवडीचो; खवदळ घालपी.

trough (n) लाकडाची कोळमी; दोण; गवण; □ दोन ल्हारां-मजगतची खांच, खळी.

trounce (v) (झुजांत बी) दुसऱ्या पक्षाक सडीक मार दिवप; दानाधिसपट करप; पराभव करप; भूंयभरवण करप.

troupe (n) कलाकारांचो पंगड, गट (भोंवती नाटक कंपनी बी).

trousers (n) लांब कालसांव.

trousseau (n) (लग्नांतलो) हॉंकलेचो साज-शृंगार.

trout (n) एक सावें नुसतें.

trowel (n) गंवड्याची थापी; माळ्याचें ल्हान खोरें, फावडें.

truant (n) शाळा चुकोवपी विद्यार्थी; काम चुकोवपी कामगार.

truce (n) तत्पुरती झूज-बंदी; लडाय थांबोवपाची संबंदितांनी केल्ली थारावणी; तह; कसल्याय वायटाचें तत्पुरतें आडावण.

truck (n) (घो) ट्रक; लॉरी; म्हाल हाड-व्हर करपी वाहन; □ वेपारी म्हाल; □ संबंद.

truculent (adj) झगड्याक शिंवशिंवपी; मारामारी करूंक फुरफुरपी; झगडाळ.

trudge (v) जड पावलांनी सवकास चलप; • **(n)** पुरो करपी लांब फेरो, भोंवाडो.

true (adj) खरो; सत्य; बरोबर; इमानी; प्रामाणिक; फटीचो, बनावट न्हय असो.

trumpet (n) (घो) ट्रम्पेट; पेंपारें; शींग; कोर्नो.

truncate (v) (झाड) बोडकावप; बेणावप; मोडून घालप.

truncheon (n) पोलिसांच्या हातांतलें रोत (कांय देसांनी).

trundle (v) (गाडी) धुकलप; गडगडावन व्हरप; • **(n)** ल्हान चक्र.

trunk (n) (घो) ट्रंक; प्रवासाची ट्रंक; □ रुखाचें कांड; □ कुडीचें धड; □ हतयाची सोंड; • **trunk-call (n)** (घो) टेलिफोनाचो ट्रंक कॉल; • **trunk-road (n)** राष्ट्रीय मार्ग; मुखेल मार्ग.

truss (v) चरांटून बांदप; □ पुलाक बी खांब्यांचो आधार दिवप; • **(n)** तण वा कड्डाचो पेंडको.

trust (n) ट्रस्ट; विश्वस्त मंडळ; □ विस्वास; भरवंसो; भावार्थ; पातयेणी; • **(v)** विस्वासप; पातयेवप; भरवंसो दवरप; भावार्थ दवरप, आसप; • **trustworthy (adj)** विस्वासू; विस्वास दवरूंक योग्य; भरवंशाचो.

truth (n) सत्य; खरें; वस्तुस्थिती.

try (v) प्रयत्न करप; (कपडो आंगार घालून) पळोवप; (खाण बी चाखून) पळोवप; □ कोर्टांत खटलो चलोवप; □ बेजार करप; □ कसवटणेक लावप; • **(n)** संद; प्रयत्न; • **trying (adj)** कश्ट, दगदग दिवपी; पुरो करपी; बेजार करपी; कणकणावपी; हाल-उपाद्ऱ्यांचो; □ कठीण; अवघड.

tryst (n) सुमेळ; भेटेची थारायल्ली वेळ आनी सुवात; मीलनस्थळ.

tub (n) (घो) टब; मोटें घंगाळ; व्हड कोळमी; जातूंत बसून न्हातात, न्हाणयतात अशें आयदन; • **tubbish (adj)** (मनीस) गिड्डो तसो मोटो; गाडगुलांव.

tube (n) (घो) ट्यूब; □ नळ; नळी; □ मलमाचो, टूथपेस्टीचो बी ट्यूब; □ सायकलीचो बी ट्यूब; □ भुंयारी रेल्वे; • **tube well (n)** नळ-बांय.

tuber (n) बटाट, कारांदो, कणंगासारको बी मातयेंत जावपी जिनस; कंद.

tubercle (n) गूठ, गांठ; • **tuberculosis (n)** बारीक जोर; धंगरखांक; क्षयरोग.

tubing (n) लांब नळ, पायप बी; • **tubular** (adj) नळी कसो.

tuck (n) कपड्याक घाल्ली दोड, मेटण; न्हेसणाच्यो मिरयो; भुग्याचें खाण (चॉकलेटी, केक बी); • (v) दोडप; खोवप; घडी करून दवरप; □ कुरंगुटी करप; □ पोट भरून जेवप.

Tuesday (n) मंगळार.

tuft (n) गोंडो, तुरो (तणाचो, पांखांचो, केंसांचो बी).

tug (v) कच्च करून ओडप; झोंपय मारून घेवप; • (n) झोंपय; हिसको; □ व्हडल्या तारवाक ओडपी ल्हान यंत्रबोट.

tug-of-war (n) बळगें जोखूक दोन पंगडांचो राजवाचीं दोशींवटेन पोंता ओडपाचो खेळ.

tuition (n) (घो) ट्युशन; विद्यालयाभायर अडेची पाठांची शिकवण.

tumble (v) कोसळप; गडगडून पडप; घो करून पडप; कित्याकूय आडखळून पडप; हेवशीन तेवशीन लोळप; विसकटप

tumbler (n) (घो) टंबलर; ल्हान पोंदाचे उबें कप; □ नाडेपेन्नकार; डोंबारी.

tumescence (n) सूज.

tummy (n) पोट.

tumour (n) (घो) ट्युमर; कुडींत भितर जाल्लें गुठ; गाठ; वाडिल्लें मासकूट.

tumult (n) कलकलाट; जम्याचो बोवाळ; गोंदळ; अच्छेव; • **tumultuous** (adj) बोवाळाचो; कलकलाटाचो; गाजघडघडाचो.

tun (n) सोऱ्याचें व्हडलें बल्ल.

tuna (n) दर्यातलें एक नुसतें; दायण.

tune (n) सूर; सुरावट; चाल; सूरमेळ; □ मनाची अवस्था; • (v) वाद्य सुरार लावप; रेडियोचेर जाय तें स्टेशन लावप.

tunic (n) पोलिसांचें आंगाक चप्प बसपी आंगाचें; □ जाकीट; कुतांव.

tunnel (n) बोबद; बोगदो (दोंगर पोखरून व्हेल्लो; न्हंयेपोंदच्यान केल्लो); तळवाट; भुंयारांतली वाट.

turban (n) माथ्याक बांदचेलें वस्त्र; मुंडासो.

turbid (adj) खवदूळ; ढोंस; □ (वातावरण) गोंदळाचें; चांचाळीचें.

turbine (n) उदकाच्या, वाऱ्याच्या झोतार चलपी चक्र (यंत्र).

turbulent (adj) खवदळो; आवरणें नाशिल्लो; खुबिल्लो; आटापा येनाशिल्लो.

turf (n) (घो) टर्फ; जंय एका तळार हरयाळी किल्लायल्या अशें मळ, सुवात; □ धांवपाचे सर्तीचें मळ.

turgid (adj) सुजिल्लो; सुजीक लागून फुगिल्लो; □ (भास) बडवाचाराची; पोक्या लातबडायांची.

turkey (n) टर्की; (मांसाखातीर) बदक, हांयस.

turmeric (n) हळद.

turmoil (n) खवदळ; गोंदळ; घोंसळ; चांचाळ.

turn (v) घुंवप; भोंवाडे मारप; वळप; फाट परतप; □ चावी, स्क्रू बी घुंवडावप; □ बदलप; गिरगिरप; गिरगिरावप; मोडण घेवप; □ (पिराय) हुपप; □ लेथीर आकार दिवप; • (n) भोंवाडो; मोडण; बदल; फावट; पाळी;• **turner** (n) लेथीर काम करपी; • **turning** (n) मुखेल मोडण (रस्त्याचें बी); • **turning-point** (n) बदलाची म्हत्वाची घटका, सुवात.

turncoat (n) सुवार्थाखातीर दुसऱ्या पक्षाक मेळपी.

turnip (n) सलगम नांवाचो रोपो; नाब; गड्डो.

turnover (n) व्यापार-धंद्यांतली दुडवांची उलाढाल; एकंदर वेव्हार; □ बदल.

turnstile (n) (जांतल्यान एकल्याच्यानूच वचूंक जाता अशें) घुंवत्या चक्राचें दार.

turpentine (n) तिर्पेंतीन; रंग पातळ करूंक वापरपाचें एक तेल.

turpitude (n) विकृती; विकटाय; उणाकपण.

turquoise (n) पाचवो-निळसो खडो; □ पाचवो-निळसो रंग.

turret (n) किल्ल्याचे वणटीक बांदिल्ली कूड; शेजो; □ बोटीवयली तेळणी करपाची कूड.

turtle (n) दर्यांतलो कासव.

tusk (n) हतयाचो, रानदुकराचो बी दांत, सुळो.

tussle (n) खर झगडें; लटाफट.

tutelage (n) भुरग्याची राखण; पालकत्व; शिकवण.

tutor (n) भुरग्याक शिकोवंक नेमिल्ली व्यक्ती; भुरग्याक घरा शिकोवपी; □ कॉलेज, युनिवर्सिटींतलो विद्यार्थ्यांचो अभ्यासांत मार्गदर्शक; • **(v)** शिकोवन तयार करप; खासगत शिकवण दिवप; • **tutorial (n)** विद्यार्थ्यांक, विद्यार्थ्यांच्या गटाक खासगत शिकवण.

twaddle (n) झांक; बासकळ बडबड.

twain (adj) जोडें; जोडी.

twang (n) वाद्याचो झंकार; झण्ण आवाज; टणत्कार; □ नाकयां आवाज; • **(v)** झंकार काडप.

tweak (v) नाक, कान, हात बी पिळप; चिमटो काडप.

tweed (n) लांचें दाट, मोव लुगट.

tweet (n) सुकण्यांचें चिंवचींव.

tweezers (n) सामको ल्हान चिमटो (वैजाचो बी); सांडस.

twiddle (v) (एकादरी वस्त) गिरगिरावप; चाळो करप.

twice (adv) दोन खेपो; दोन फावटी.

twig (n) ताळकूट; ताळी; देळो; आडफागूर; शिरें; • **(v)** कितेंय समजप; अचकीत कळप.

twilight (n) फांतोडेचो, तिनसांजचो मंद आवाज; जिळमिळें; तिनसांज; आमोरी; गोरज; □ जिविताचो सोंपतो काळ.

twin (n) जुवळ्यांतलें एक; जुवळें; □ एकासारक्या दोन वस्तूंतली एक.

twine (n) विणिल्ल्या सुताची घट दोरी; • **(v)** पीळ घालप; गुठलावप; □ वालीभाशेन मोडणांनी, वेटाळ्यांनी वयर सरप.

twinge (n) अचकीत आयिल्ली कळ (मानेक बी).

twinkle (v) नखेत्रांचें मिणमिणप; (दोळे) लिकलिकप; • **(n)** मिणमीण; लिकलीक.

twirl (v) पीळ दिवप; गिरगिरावप; घुंवडावप; • **(n)** गिरगिरें.

twist (v) पिळप; घुंवडावप; गुठलावप; तिरपप; □ जाय तसो अर्थ लावप; अर्थांत बदल करप; मोडण घेवप; अर्थाचो अनर्थ करप; • **(n)** पीळ; वीण; भोंवाडो; फेरो.

twit (v) हांसहांसत तिडावप; फकाणांनी थोमणो मारप; • **(n)** मूर्ख मनीस.

twitch (v) ओडप; झटको येवप; दिवप; • **(n)** झटको; हिसको.

twitter (v) शेवण्यांचें चिंवचिंवप; □ गडबडींत उलोवप.

tycoon (n) मोटो जबरदस्त उद्देगधंदेकार.

tympanum (n) कानाचो पड्डो.

type (n) जात; तरा; नमुनो; पद्दत; वर्गण; □ छापचेलो खिळो; छापिल्लें अक्षर; • **typescript (n)** छापिल्ली, टायप केल्ली प्रत; • **typesetter (n)** (घो) टायपसॅटर; टायप जुळोवपी मनीस, यंत्र; जुळारी; • **typewriter (n)** (घो)

टायपरायटर; • **typist (n)** (घो) टायपिस्ट; • **typography (n)** मुद्रणकला; बरप छापपाची विद्या.

typhoid (n) (घो) टायफॉयड; तिफोयत जोर; दिसांचो जोर.

typhoon (n) चक्री वादळ; (दर्याक आयिल्लें) मोड.

typical (adj) विचित्र; नमुनो कसो; सभावगुणान, लक्षणान (वर्गणाभाशेन) तस्सो.

tyrannical (adj) जुलमी; आगळीक करपी; अन्याय, जबरदस्ती करपी; • **tyranny (n)** जुलूम; जबरदस्ती; पिडापीड; □ जुलमी राजवट; जबरदस्तीचो कारभार; • **tyrant (n)** जुलमी राजा; पिडपी सत्ताधीश; □ हातासकयत्यांक पिडापीड भोगोवपी निश्ठूर व्यक्ती.

tyre (n) (घो) टायर (मोटारीचो, सायकलीचो बी); चक्राची रबरी धांव.

tzar (n) (घो) झार; रशियेचो एका काळचो पातशाय.

U u

U u रोमी अक्षरमाळेचें एकविसावें अक्षर.

ubiquitous (adj) सर्वव्यापी; जाचें अस्तित्व सगलेकडेच जाणवता असो.

udder (n) (गायची, बोकडेची बी) होंट; कास.

ugly (adj) कुरूप; विद्रूप; विकराळ; हळशिकावणो.

ulcer (n) (घो) अल्सर; पेकना तसलो कुडीक भायर भितर पडिल्लो कातरो; चवन, घाय; फोड; (भितल्ल्यान कोरांतपी) मनाची पिडा.

ulna (n) मनगटाची कांब.

ulster (n) काबाय; लोब; सदळ लांब ज्युदी.

ulterior (adj) अंतस्थ; मनांतलो; भायल्यान कळना असो; गुपीत; □ पेलेवटेनचो; मुखावयलो; उपरांतचो.

ultimate (adj) निमाणो; निमाणचो; अखेरचो; अंतीम; □ मुळावो; • **ultimatum (n)** अंतीम इशारो; निमाणची शिटकावणी; • **ultimo (adv)** गेल्ल्या, फाटल्या म्हयन्याचो.

ultra (prep) चड; जाय वा फावो ताचेपरस अदीक; भायलो; पेलो; • **(n)** उग्रवादी; कट्टरवादी; • **ultra-careful (adj)** चड जपपी; चड राखपी; • **ultra vires (adj)** अधिकारापेलो.

ultramarine (adj) गाड निळो (रंग); □ दर्यापेलो.

ultrasonic (adj) (आवाजाच्या ल्हारासंबंदीत) श्राव्यातीत; आवाजाचे कक्षेपेलो.

umber (n) हळडुव्या-पुडी रंगाची शेड.

umbilical cord (n) बोमलेची नाळ.

umbrage (n) अपमान; दुर्लक्ष केल्ल्याची भावना; जाळ; □ सावळी.

umbrella (n) सत्री; □ इरलें; सांतली.

umpire (n) (घो) अंपायर; रेफ्री; खेळांतलो पंच; मदेस्त; • **(v)** खेळांत पंच म्हणून वावरप.

umpteen (adj) जायतो; खूब; घे म्हणून; हजार (फावटी).

unabated (adj) (पावस) लागून पडपी; मात पूण ओखळ घेना असो; हरंधारांचो.

unable (adj) असमर्थ; जाका (कितेंय करप) शक्य जायना असो.

unaccountable (adj) जाचो हिशोब दिवंक येना असो; कारण सांगूंक येना असो.

unadulterated (adj) जातूंत भरस ना असो; निवळ.

unaffected (adj) जाचेर बरो वायट

परिणाम जायना असो; जातूंत बदल करूंक ना असो.

unanimous (adj) सर्वमान्य; सगल्यांक मान्य असो; सर्वपसंतीन थारायल्लो; • **unanimity (n)** एकमत; सर्वपसंती; सगल्यांची मान्यताय.

unanswerable (adj) जाका जाप ना असो; खोडून काडूंक नज असो (मुद्दो).

unarmed (adj) जाचेकडेन शस्त्र, आयुद बी ना असो; निश्शस्त्र.

unauthorized (adj) अधिकृत मान्यताय नाशिल्लो; अधिकाऱ्यांनी परवानगी दिवंक ना असो; चीट दिवंक ना असो.

unaware (adj) जाण नाशिल्लो; म्हायती नाशिल्लो; • **unawares (adv)** अचकीत; नुलयत.

unbearable (adj) सोसूंक नज असो

unbelievable (adj) खरो दिसना असो; पटना असो, विश्वास दवरूंक कठीण असो (प्रसंग).

unbolt (v) (दाराची) खिळी काडप; उकतें करप.

unbounded (adj) शीम-मेर नाशिल्लो.

uncalled for (adj) (टिका) कारणाबगर केल्ली, अकारण; जिची गरज ना अशी; अप्रासंगिक; रुक्ष.

uncanny (adj) विक्षिप्त; रहस्यान भरिल्लो; भयांकृत.

uncared for (adj) उपेक्षिल्लो; जतनाय घेवंक ना असो, जाचेकडेन दुर्लक्ष जाला असो.

uncertain (adj) खात्री नाशिल्लो; खबर ना असो; थारावंक ना, दुबावाचो, नक्की ना असो.

uncivil (adj) असभ्य; रीत-रवीस नाशिल्लो.

uncle (n) (घो) अंकल; (भुरग्यांचे नदरेन) जाणटेलो; □ नात्यान मामा, बापोलयो, मावळो.

unclean (adj) म्हेळो; बुरसो; घाणयारो; हळशिकावणो.

uncommon (adj) असामान्य; सामान्याभायलो; अपरूप; मेळूंक, दिसूंक कठीण असो.

uncompromising (adj) तडजोडीक तयार ना असो; आपलें धारणेर थीर रावपी; बदना असो; कठोर.

unconcerned (adj) चिंता, हुसको नाशिल्लो; पर्वा करिनाशिल्लो; जाका (कांयच) लागना असो.

unconditional (adj) अटींविरयत.

unconfirmed (adj) खरी म्हणून सिद्ध जावक ना अशी व जावची आसा अशी (खबर).

unconscious (adj) सुद्द वगडायल्लो; सयराण वगडायल्लो; बेशुद्ध; जाण नाशिल्लो; □ दुसरो हेतू ना असो.

uncover (v) उकताडा हाडप; धांपणें काडप; परगटावप; उकतो करप.

uncultivable (adj) (जमीन) वशाड; पडंग.

uncut (adj) कातरूंक ना, जाचो आकार ल्हान करूंक ना असो.

undaunted (adj) निर्भय; धीट; धिरिश्ट; (वारे-वादळाक) बाडगना असो.

undecided (adj) अनमनपी; निर्णय घेवंक ना असो; थारावंक ना अशी (तारीख).

under (prep, adv) पोंदा; सकयल; तळा; □ पावड्यान, पिरायेन सकयल; □ शेकातळा; हाताखाला; सुवादीन, अदीन.

undercharge (v) (वस्तूक) उणें मोल लावप; फावता ताचेपरस उणें मोल घेवप.

underclothes (n) अंतर्वस्त्रां; भितल्लीं वस्त्रां.

underdog (n) (मनीस) पाळवो; हारिल्लो; शेणिल्लो; दुर्भागी; शेकापोंदा जियेवपी; कंगाल.

underestimate (v) मोल, बळ उणें लेखप; तांक उणी मानप.

underfed (adj) खाण-जेवण सारकें मेळना असो; अर्द्या पोटार जियेवपी.

undergo (v) सोंसप; भोगप; अणभवप; (वखद-विर्सद) चालू करप.

undergraduate (n) पदवी परिक्षे पासत अभ्यास करपी कॉलेज विद्यार्थी; पदवे आदलें मेरेन शिक्षण घेतिल्लो विद्यार्थी.

underground (adj) भुंयेपोंदचो; (रेल्वे बी) भुंयेपोंदच्यान वचपी; भुंयेतळाभितर रावपी; □ भूमिगत (कार्यकर्तो).

underhand(adj) (वेव्हार) लिपचोरयां केल्लो; कायदो मोडून केल्लो; गुमानीत.

underline (v) (उतरापोंदा, वाक्यापोंदा बी) ओळ मारप; नेट दिवन सांगप; भर दिवप.

underlying (adj) मुळावो; मुळाक आशिल्लो.

underpay (v) सामको उणो पगार दिवप.

underprivileged (adj) गरीब (वर्ग); दुडवांकारांक जे फायदे वा सोंपेपणां मेळटात तीं जाका मेळनात असो (वर्ग).

undersigned (adj) (फोलीचेर, पत्राचेर) खाला निशाणी करपी.

understand (v) अर्थ समजप; कळप; सारको वळखप; (म्हायतेच्या आधारान) लक्षांत घेवप; • **understanding (adj)** समज आशिल्लो; समजिकायेचो; दुसऱ्याच्या भावनांची कदर करपी; • **(n)** स्पश्ट येवजुपाची, चिंतपाची तांक; दुसऱ्याची कदर करपाची तांक; चुरको; समजाविशी; सन्मथ.

undertake (v) (जापसालदारकी, लागणूक) आंगार घेवप; (जबाबदारी घेवपासंबंदान) उतर दिवप; पत्कर घेवप.

underworld (n) चोरयो, मारामाऱ्यो, खून बी करून जियेतल्या लोकांचो संवसार; गुन्यावगारी संवसार.

undesirable (adj) नाका असो; नश्टो; अप्रिय.

undeveloped (adj) जाची वाड, उदरगत जावंक ना असो; अविकसीत.

undo (v) सोडोवप; मेकळो करप; (कित्यांतूय गुठलायिल्लें) उकतें करप; (केल्लें) बातील करप; रद्द करप; इबाडप; नश्ट करप; पाड घालप.

undoubted (adj) दुबावापेलो; खात्रीचो; जंय वाद ना असो.

undress (v) आंगावयले कपडे काडप; नागडो जावप, करप.

undue (adj) अतितायेचो; नाका जाल्लो; गैर; अयोग्य; कायद्याभायलो; □ (रीण, कर बी) फारीक करपाचो दीस येवंक ना असो.

undulate (v) लहारांभाशेन वयर-खाला जावप; वाऱ्यार धोलप.

unearth (v) जमनींतल्यान खणून, उस्तून काडप; तपास करून सोदून काडप; उकताडा हाडप.

uneasy (adj) कांचवेल्लो; हुसक्यांत पडिल्लो; भयाभीत; चिंतेस्त; उचांबळ; □ खात्री दिवंक येना असो; अस्थीर.

uneatable (adj) खावंक योग्य न्हय असो.

uneconomic (adj) खर्चाळ; म्हारग; परवडपाचो न्हय असो; आदाव, फायदो नाशिल्लो.

uneducated (adj) अशिक्षित; अन्नाडी; नेणार; गय्या.

unemployed (adj) काम नाशिल्ल्यान

जोड नाशिल्लो; नोकरी नाशिल्लो; बेकार; □ वापरांत ना असो.

unending (adj) अंत नाशिल्लो; सोंपना असो; थांबनाशिल्लो; सासणाचो.

unequal (adj) सारकाय नाशिल्लो; असमान; तळ सकयल-वयर आशिल्लो; बारीक-मोटो, ऊंच-सकयल बी; • **unequalled (adj)** अद्वितीय; जाचे व्हडविकेक कोण लागना असो; सर्वश्रेश्ठ; सर्वोच्च; मगल्यांपरस व्हडलो; तुळा करूंक नज असो.

unequivocal (adj) स्पश्ट; दुबावापेलो.

uneven (adj) खडबडीत; ऊंच-सकयल; सपाट वा एका तळार नाशिल्लो; □ बदलपी.

unfailing (adj) अचूक; सामणाचो; लागून; खात्रीचो; निश्चीत; खळनाशिल्लो.

unfair (adj) अन्यायी; अप्रामाणिक; वांकडो; अनितीवंत.

unfaithful (adj) उलर, मोपूत मोडपी; व्यभिचारी; विस्वासघात करपी; घातमारो; अप्रामाणिक; :: जिस्ताजिस्त नस्य अशी (प्रत).

unfamiliar (adj) अनवळखी; संवकळ, दाटी नाशिल्लो; नवखो, अणभव नाशिल्लो; नवो.

unfathomable (adj) अगड.

unfinished (adj) अर्दकुटो; अपुरतो; तुटको; विखड; :: (रंग, पॉलीश वी घारप) पूर्ण जावंक ना असो.

unfit (adj) जाय ती पदवी नाशिल्लो; कुवेत नाशिल्लो; अपात्र; बाबत; अयोग्य; (कुडीक) जाय तें बळ नाशिल्लो; अशक्त.

unfold (v) दोडिल्लो वा कवळळेलो उकतो करप; घडी मोडप; उसोवप; उकताच्य हाडप; आपणपूण उकतो जावप; परगटप.

unfortunate (adj) इपर्दैत सांपडलेलो; नशीब नाशिल्लो; दुख्खी; निर्भागी; कर्मकट्टो; □ (भाशण बी) अयोग्य; जें करूंक फावना तसलें.

unfounded (adj) बुनयाद नाशिल्लो; आधार नाशिल्लो; सिद्ध जावंक ना असो.

unfriendly (adj) (करणी) इश्टागतीची नस्य अशी; दुस्मानकायेची; वायटाक पडपाची.

unfurl (v) (कवळो) सोडप; सोडोवप, मेकळावप; बावटो हुबोवप.

ungrateful (adj) अनुपकारी; कृतघ्न; पळ्मूर; इंग्रात.

unguarded (adj) गखण नाशिल्लो; उकतो; मेकळो; जागरूक नाशिल्लो.

unhappy (adj) दुख्खी; खंती; खेदिश्ट; अभागी; अप्रसन्न; (उद्गार) प्रसंगाक फावना असो.

unharmed (adj) इजा जावंक ना असो.

unhealthy (adj) पिडेस्त; पिडेखोर; रोगयाळो; भलायकी नाशिल्लो; विकृत; वायटार पडपी.

unholy (adj) अमंगळ; अपवित्र; अनितीचो.

unhusked (adj) कल्ल काडुंक ना असो.

unicorn (n) जाच्या कपलांतल्यान शींग फुटला असो कल्पनेंतलो धव्या घोड्यासारको प्राणी.

uniform (adj) एकसारको; रंगान, आकारान, भाशेन बी एकेच तरेचो; • (n) पोलिसांचो वा विद्यार्थ्यांचो खाशेलो भेस; वर्दी; गणवेष; गणभेस; • **uniformity (n)** एकसारकेपण; सारकाय; समानताय.

unify (v) एक करप; एक जावप; एकवटप; एकठावप.

unimportant (adj) म्हत्व नाशिल्लो; नगण्य; किरकोळ.

unintelligible (adj) (अक्षर) समजना, कळना अशें; गिचमीड; कठीण; मर्तीत वचना अशें; अगम्य.

uninterested (adj) जाणा जावपाची इत्सा नाशिल्लो; उदासीन; बेपर्वा; □ सुवार्थ नाशिल्लो.

uninterrupted (adj) (पावस बी) लागून पडपी; धारेन पडपी; ओखळ घेनाशिल्लो; आसर नाशिल्लो; □ (प्रवास) मर्दीं थांबनासतना केल्लो, करपाचो.

uninvited (adj) आपोवंक नाशिल्लो; (सल्लो) मागूंक नाशिल्लो; गरज नाशिल्लो; आगांतूक.

union (n) एकवट; एकठावणी; एकचार; मेळ; संघ; संस्था; (कामगार) संघटना.

unique (adj) अपरूप; जाचे सारको दुसरो ना असो; एकमेव.

unison (n) सुमेळ; सुसंवाद; एकमत; समजिकाय; एक आवाज; सूरमेळ; • **in unison (adv)** वांगडा; सांगातान; एका आवाजान; एका ताळ्यान.

unit (n) एकम; पुराय एक वस्त वा एक पंगड; □ मेजपाचें मुखेल माप; □ विजेची युनीट; □ सैन्याचो पंगड; □ संख्येंतलो एकमचे सुवातेवयलो आंकडो.

unite (v) एक जावप; एकवटप; एकठावप; मेळ घडोवप; जोडप; • **united (adj)** एकवटीत; एकचारान रावपी; (वावर) एक जावन केल्लो; एकमतान केल्लो; एकठांय येवन केल्लो; • **unity (n)** एकवट; एकचार; एकी; वेगळ्या-वेगळ्या घटकांचो सुमेळ वा एकठावणी; आपसांत एकमत.

universe (n) विश्व; आख्खो संवसार; मनीसकूळ; सर्वव्यापी ब्रह्मांड; • **universal (adj)** संवसारीक; सगल्यांक लागतो; विश्वाचो; सगले मनीस-कुळयेचो; सर्वव्यापी; □ (भास) सगल्यांक समजुपासारकी.

university (n) विद्यापीठ; विश्वविद्यालय.

unjust (adj) जो सारको न्हय असो; नितीआड; अनितीवंत; अन्यायाचो; • **unjustly (adv)** अन्यायान.

unkind (adj) दयामाया नाशिल्लो; चुरको नाशिल्लो; निश्ठूर.

unknown (adj) खबर नाशिल्लो; वळख-पाळख ना असो; अनवळखी; नांव, नामना जावंक ना असो (कलाकार).

unlearned (adj) नेणार; शिकप मेळूंक नाशिल्लो.

unless (conj) ना जाल्यार; खेरीज; बगर.

unlike (adj) वेगळो; एकेच तरेचे न्हय अशे; विंगड-विंगड; • **unlikely (adj)** शक्यतायेपेलो; असंभव.

unlimited (adj) शीम-मेर ना असो; जाय तितलो; कितलोय; अमर्याद.

unload (v) वाहनांतलो म्हाल देंवोवप; रिकामो करप.

unlock (v) (कलयाद) काडप, उकतें करप; कुलप काडप; धांपिल्लो उकतो करप; बंधनांतलो मेकळो सोडप.

unlucky (adj) अभागी; दुर्भागी; दुर्दैवी; □ अमंगळ; अपशकुनी; निर्शेणी भोगोवपी.

unmanned (adj) तारवटी नाशिल्लें (तारूं); चलोवपी नासतना – रिमोट कंट्रोलान वचपी (विमान बी); राखणदार नाशिल्लो (रेल्वे दरवटो); जंय वसती ना असो (प्रदेश).

unmarried (adj) लग्न जावंक ना अशी (व्यक्ती); अविवाहीत; आंकवार.

unmask (v) तोंडावयलें रुपडें काडप; मुखडो निखळावप; (चोरी बी) उकताडा हाडप; आसा तसो मुखार येवप, हाडप.

unmindful (adj) पर्वा नाशिल्लो; भीड-मुर्वत नाशिल्लो; बेपर्वा; दरकार नाशिल्लो.

unmistakable (adj) स्पष्ट; चुको नाशिल्लो.

unmoved (adj) थीर; शांत; गळगळून वचना असो; उचांबळ जायना असो.

unnatural (adj) कृत्रीम; सैमाआड; सभावाआड; उरफाटो; रीत-रविसाआड; □ विक्षिप्त, बळयांचो (नेट), माणसुकेभायलो.

unnecessary (adj) गरज नाशिल्लो; व्यर्थ; कारणाविरयतचो.

unoccupied (adj) रिती; रिकामी; जातूत कोण रावना असो; मेकळो, □ वावर-धंदो नाशिल्लो.

unorganized (adj) संघटीत न्हय असो; असंघटीत, मेळ, मांडावळ नाशिल्लो, एकवट नाशिल्ले (कामगार).

unpack (v) (काशीत बी घाल्ल्यो वस्तू) भायर काडप, कपडे बी (बेंगातल्यान) भायर काडप; □ ओजें देंवोवप.

unparliamentary (adj) असंसदीय; संसदेच्या रिती-नेमाक सोडून आशिल्लो.

unpleasant (adj) नाका दिसपी; समाधान, आनंद दिना असो; दुखद दिवपी.

unploughed (adj) (भूय) कसूंक नाशिल्लो; कमाविशी करूंक नाशिल्लो.

unpopular (adj) लोकाक जाचें आपलेपण दिसना असो; लोकाक नाका जाल्लो; लोकांत नावडटो.

unpractical (adj) वेव्हारी न्हय असो; वेव्हारांतलें कळना असो; अवेव्हारी.

unprecedented (adj) जें हाचे आदीं घडूंक ना अशें (थाटाचें, अजापाचें, भयंकर बी); तुळा करूं नज अशें (वादळ, मोड बी).

unprincipled (adj) तत्वहीन; सुवार्थाखातीर कितेंय करपी.

unqualified (adj) (जाय त्या कामाची) पदवी प्राप्त करूंक ना असो; अपात्र; लायक न्हय असो; □ तोंडाक येता तशी, धरबंद नाशिल्ली (टिका).

unquestionable (adj) सामको खरो; बरोबर; दुबाव घेवंक फावना असो; जाचेविशीं प्रस्नूच उपरासना असो.

unravel (v) (सूत बी) घुसपलां तें सोडोवप; मेकळें करप; कुवाडें, गुमानीत, गोमनाणें सोडोवप; उसोवप.

unreal (adj) प्रत्यक्षांत नाशिल्लो; अस्तित्व नाशिल्लो; खरो न्हय असो; कल्पनेतलो; येवजणेंतलो; अडेचो; अप्रामाणिक.

unreasonable (adj) अयोग्य; हिसपाभायलो; अन्यायाचो; जाय ताचेपरस चड, अविचारी; शाणेपण नाशिल्लो; समज नाशिल्लो; योग्य न्हय असो.

unreserved (adj) मनान मेकळो; दाखय-लिपय नाशिल्लो; उकतो; मख्ख न्हय असो; □ (वसका बी) राखून दवरूंक ना अशी; अमक्याच खातीर म्हणून राखपाची न्हय अशी; आरक्षीत न्हय अशी; मेकळी; □ पुराय; पुरतो.

unrest (n) खवदळ; चांचाळ; अशांत परिस्थिती; बंड.

unrestrained (adj) आवरणें नाशिल्लो; बंधन नाशिल्लो; आपसुलाद.

unripe (adj) पिकूंक ना असो; पिकून तयार जावंक ना असो.

unrivalled (adj) तुळेक लागना असो; जाका सर्त करिसारको दुसरो ना असो; बऱ्यांत बरो.

unroll (v) (पड्डो बी कवळ्ळेलो) सोडोवप; हळू-हळू उकतो जायत वचप; उकतो करप; उगडप.

unruly (adj) आटापा येना असो; खवदळो; आडांगी; शिस्त नाशिल्लो; बेशिस्त.

unscrew (v) मळसूद काडप; स्क्रू काडप; (जें घट्ट केलां तें) स्क्रू काडून सोडोवप.

unscrupulous (adj) दुश्ट; पाडो; तत्वहीन; कितेंय करपी; सव्य-अपसव्य लागनाशिल्लो.

unseen (adj) पयलीं पळोवंक ना असो; दिश्टी पडूंक ना असो.

unselfish (adj) निसुवार्थी; उदार; काळजान व्हड.

unskilled (adj) (काम) जें करूंक खाशेलें शिकप वा कुशळताय लागना अशें; □ (कामगार) जो फिशाल न्हय असो.

unsocial (adj) चारचौगांत, समाजांत राविना असो; असामाजिक; लोकापासून पैस रावपी; □ समाजद्रोही.

unsound (adj) (मन) जाग्यार नाशिल्लें; विरार; अस्थीर; पिडेस्त; □ (सल्लो) भरवंशाचो न्हय असो; वांकडो; □ घटसाण नाशिल्लो.

unspeakable (adj) उतरांनी परगटावंक कठीण असो; वर्णन करूं नज इतलो; □ उच्चारपाचो न्हय असो.

unsung (adj) जाचो भोवमान जालो ना, जाचे कोणें गूण गायले नात असो.

unsuspected (adj) दुबावाचो न्हय असो; येवजिले ना अशे (गूण).

untangle (v) घुसपणेंतलो सोडोवप; गोंदळ ना करप.

unthinkable (adj) येवजूंक लेगीत कठीण; चिंतूंक नज असो; हिसबाक धरपाचो न्हय असो.

untidy (adj) नेटकेपण नाशिल्लो; अवेवस्थीत; कळिंद्री; विसकटलेलो.

untie (v) (बांदिल्लो) सोडप; बंधनांतलो मेकळो करप; गांठ सोडप.

until (prep) मेरेन; पर्यान.

untouched (adj) जाका स्पर्श करूंक ना असो; • **untouchable (adj)** जाका आफडूंक फावना असो; अस्पृश्य.

untrue (adj) चूक; फट; □ अप्रामाणिक; फटिंगपणाचो.

untwist (v) पडिल्लो पीळ सोडोवप; (गुठलायल्ली सरी बी) सरळ करप.

unused (adj) वापरूंक ना असो; (अमकें एक करपाची) संवय नाशिल्लो; • **unuseful (adj)** अनुपेगी; उपकरनाशिल्लो.

unusual (adj) असामान्य; सदांपरस वेगळो; विलक्षण.

unutterable (adj) वर्णन करूं नज इतलो वायट; उतरांनी सांगूं नज असो.

unveil (v) (पुतळ्याचें बी) अनावरण करप; धांपणें काडप; उकतो करप; रुपडें काडप; लोकापासून लिपयल्लें जाहीर करप.

unwary (adj) घाळ; चत्राय नाशिल्लो; शिटूकसाण नाशिल्लो.

unwelcome (adj) जो आयिल्लो नाका असो (अतिथी).

unwell (adj) भलायकेन बरो नाशिल्लो; पिडेस्त.

unwholesome (adj) (हवामान) भलायकेक वायट; (खाणा-जिनस) उणाक पांवड्याचे.

unwieldy (adj) (खूब जड, व्हड, वांकडें-तिकडें देखून) हाताळूंक अवघड; अगडबंब.

unwilling (adj) इत्सा, उमेद, तयारी नाशिल्लो; खोस नासून केल्लें वा सांगिल्लें.

unwind (v) चवनावयली, घायावयली पट्टी काडप; रेवडायल्लें सोडोवप; सुशेग घेवप.

unwise (adj) शाणपण, अक्कल नाशिल्लो; मूर्ख.

unworthy (adj) अपात्र; अयोग्य; मोल, लायकी नाशिल्लो; (वर्तन) हुद्याक सोबनाशिल्लें.

unwrap (v) वस्त गुठलायल्या तें कागद वी काडप; घांपणें काडप.

unwritten (adj) जें बरयल्लें वा छापिल्लें ना अशें, (जायत्या काळासावन) चलत आयिल्लें.

upbringing (n) लहान पिरायेर मेळिल्लें शिक्षण, देख वी.

up-country (adj) देसाच्या मदल्या वाटारांतलो.

update (v) हिशोब वी फाटीं उरिल्लो तो आयच्या दिसाभेरेन पुराय करप; सगळ्यांत नवे म्हायतेचो आमगाव करप; आयच्या काळाक फावोशी (माडावळ) करप.

upgrade (v) वयल्या हुद्दार बढटी दिवप; म्हत्व, मोल वाडोवप; गुणांनी सुधारप.

uphill (adj) पालसो; देवतो; चढटो; :: कश्टाचो; अडचणींतल्यान वचपी; • (n) उबें पालसण.

uphold (v) आधार करप; मान्य करप; फाटबळ दिवप; उबारून धरप; साबाळप.

upholster (v) कापूस, काथो वी घालून सोफा, बसका तयार करप.

upkeep (n) कसलोय वस्त चड काळ वरे अवस्थेत दवरपाची मांडणी; ठाकठीक दवरपाचो खर्च.

upland (n) आंतोड.

uplift (v) वयर काडप; उबारप; उदरगत करप; उदरगत सादप; • (n) सर्वांगी उदरगत.

upper (adj) हुद्यान, पांवड्यान, वर्गांन वयलो; ऊंचलो; अधिकारान वरतो; • **upper arm** (n) बावळो; • **uppermost** (adj) सगल्यांत वयलो; (म्हत्वाचे नदरेन) ऊंचलो.

upright (adj) उबो; तायट; बाग घेना असो; चलणुकेन उजू; नितीक पाळो दिवपी.

uprising (n) बंड; उठाव.

uproar (n) बोंबाळ; कलकलाट; धुमशेण; चांचाळ.

uproot (v) हुमट्न काडप; निखळावप; वसतेकारांक गांवाभायेर करप.

upset (v) उमथप; ओतोवप; अस्ताव्यस्त करप; विसकटावप; तळमळावप; अस्वस्थ करप, जावप; वायटार पडप; • (n) हार; पराभव; □ (पावणेक) मुर्वेची बोली; • (adj) इबाड्ला असो; जो सारको ना असो.

upshot (n) परिणाम; फळ; शेवट.

upstairs (adv, prep) वयर; वयल्या मजल्यार; तळार; वयल्या हुद्दार, पांवड्यार; • (n) वयलो मजलो; माळो; माळी.

upstart (n) अचकीत गिरेस्त जाल्लो मनीस; अडेचो गिरेस्त; नवश्रीमंत; गर्विश्ट, घमेंडी व्यक्ती.

upstream (adv) झोताआड; लोटाआड; व्हाळाचे वयले वटेन.

up to date (adj) नवे मोदीचो; आयच्या काळाक सोबसारको; □ आयच्या दिसाभेरेनचो.

uranium (n) (धो) युरेनियम.

urban (adj) शारांतलो; शारासंबंदीत; नगरातलो; □ चौगांतलो; • **urbanize** (v) गांवाचें नगर, शार करप; गांवांत शाराचीं सोपेपणां दिवप.

urbane (adj) सुसंस्कृत; शिश्ट; रितीचो; नेटको; सभ्य.

urchin (n) (भुरगो, पोर) टणटणमारी; तवनास; पारपोळ.

urge (v) मागणें करप; विनंती करप; • **(n)** खर इत्सा; ओड; उर्बा; पोटतिडक; (कितेंय करचेली) कूय; कींव.

urgency (n) ताकतीक; घालाघाल; ताकतिकेची गरज; • **urgent (adj)** गरजेचो; ताकतिकेचो; म्हत्वाचो; रोखड्यारोखडो उपाय घेवंक जाय असो.

urinal (n) मुत्री; कांसो; • **urine (n)** मूत; वाटोणें.

urn (n) अस्थीकलश; सारीपात्र; □ च्या-काफयेचें तोटयेचें आयदन; (घो) टी-अर्न.

use (v) वापरप; उपकरावप; उपेग करप; घोळोवप; खर्चप; चलोवप; प्रयोग करप; • **(n)** वापर; उपेग; हेतू; गरज; भोगवटो; • **useful (adj)** उपेगाचो; आधाराचो; उपकरपाचो; • **useless (adj)** उपेगाचो न्हय असो; कित्याक उपकरना असो; व्यर्थ; नालायक; निर्कामी.

usher (v) हुंबऱ्यार रावन येवकार दिवप; येतल्यांक बसके म्हऱ्यांत व्हरप.

usual (adj) सदांभाशेन; नित्याचो; चालंत; चालीप्रमाण.

usufruct (n) भोगवटो; फळभोग; (घो) उजुफ्रूत.

usurp (v) बळकावप; दुसऱ्याचो म्हालमतो हातासप.

usury (n) हिसपाभायर कळंतर; चड कळंतराचेर रिणां दिवपाचो वेव्हार.

utensil (n) (घरसंवसाराचें) आयदन; घरवत.

uterus (n) गर्भाशय; कुसवो.

utilitarian (adj) उपेगाचो; वापराक योग्य असो (सोबेचो न्हय असो).

utility (n) वेव्हारीक उपेग; आदाव; फायदो; भौशीक गरजेची गजाल; • **utilize (v)** उपेग, वापर करप; आदावाक लावप.

utmost (adj) सामको शेवटाचो; पोंताचो; □ चडांत चड.

Utopia (n) मनोराज्य; सपनांतलें राज्य; येवजणेंतल्या सर्गाभाशेन धर्तीवयलें राज्य.

utter (v) आवाज काडप; उच्चार करप; उद्गारप; • **(adj)** पुराय; पुरतो; • **utterance (n)** उद्गार; उच्चार; निवेदन; उलोवप.

u-turn (adj) वाहनान उरफाटे दिशेन घेतिल्लें मोडण; राजकी धोरणांत केल्लो पुराय बदल, मारिल्ली लाग.

uvula (n) पडजीब; पोटजीब.

uxorious (adj) बायलांडो; बायलबदो; बायलेच्या सांगण्याचो; • **uxoricide (n)** पत्नीहत्या.

●

V v

V v रोमी अक्षरमाळेचें बाविसावें अक्षर.

vacancy (n) रिकामी सुवात, बसका; □ नोकरेपासत रितो जागो; नोकरी; □ मनाची शुन्यावस्था; आळसाय, बेकारपण; • **vacant (adj)** रिकामो; रितो; मेकळो; जंय कांण बसूक ना वा जो कांणें आडावंक ना असो (जागो); आळसायत, बेकारमाणेंत घालयल्लो (वेळ); • **vacate (v)** (जागो) खाली करप; रितो करप; सुवात, आसन सोडप; □ (कायद्यान) रद्द करप; बंधन मेकळे करप.

vacation (n) सुटयेचे, रजेचे दीस; काम ना अशे दीस; सुटी; रजा; मेकळो वेळ.

vaccinate (v) वासीन करप; • **vaccine (n)** (गो) वासीन; लस.

vacillate (v) हेंवटेन तेंवटेन धोंलप; फाटी फुडें सरप; □ अनमनप; मत थीर नासप; मत बदलत रावप.

vacuum (n) जंय हवा ना अशी सुवात; पोकळमाण; पोकळी; रितेपण; • **vacuum cleaner (n)** धुल्ल बी ओडून घेवन गालिचे बी निवळ करपी यंत्र.

vade-mecum (n) (तत्पुरती म्हायती दिवपी) हाताकडलें पुस्तक; (सांगाताक व्हरपाची) आधाराची वस्त.

vagabond (n) वाळेस; पारपोळ; जाका घरदार ना असो जगार भोंवन पोट भरपी; आलमपेव्हडेर.

vagary (n) मनाक मारता तें कारपाची वज; हुकी; खूब.

vagina (n) योनी.

vagrant (n) वाळेस; पारपोळ; रस्ताद; जगार हेड्डून दीस सारपी.

vague (adj) अस्पश्ट; वयलेचाराचो; मोघम; वाऱ्यावयली (वदंता); मनान शेणिल्लो.

vain (adj) गर्विश्ट; अहंकारी; मिजाशेचो; फकयाचो; हंतमी; □ व्यर्थ; निर्फळ; • **vanity (n)** अहंकार; गर्व; हंतम; मिजास; भपको; बडवाचार.

valediction (n) निरोप घेवपाचो प्रसंग; निरोपाच्या वेळावयलें उलोवप, निवेदन.

valentine (n) मोगी; प्रेमी; प्रेमपत्र; • **St. Valentine's day (n)** 14 फेब्रुवारी, मोग्याचो दीस; मदनोत्सव.

valet (n) खासगत चाकरमानो; हॉटेलांतलो रूम-बॉय.

valiant (adj) धाडशी; पराक्रमी; कपशेचो; तिरूया काळजाचो; बळवंत.

valid (adj) तथ्य आशिल्लो; सत्याचेर आधारिल्लो; □ ग्राह्य; वैध; कायद्याक मान्य; घरसारको; कायद्याचें फाटबळ

आशिल्लो; □ (मुद्दो) बळादीक; अर्थ आशिल्लो.

valley (n) दोन दोंगरांमदलो अशीर प्रदेश; घळ.

valour (n) झुजामळावयलो पराक्रम; कपशी.

valuable (adj) मोलाचो; म्हत्वाचो; • **valuables (n)** भांगराच्यो बी वस्ती.

valuation (n) अधिकृत मोलावणी; (आस्पतीचें बी) अंदाजी मोल.

value (n) उपेग; वाटावाचे नदरेन मोल; दर; किंमत; अंदाज; □ भोवमान; (मोल मेळिल्ल्याचें) समाधान; □ जिस्ताजिस्त अर्थ; फोडणिशी; • **(v)** भोवमान करप; मोल थरावप; • **values (n)** तत्वां; मूल्यां; सिद्धांत.

valve (n) (घो) वाल्व; हवा, द्रव टायरांत बी भितर घेतकूच भायर सरूंक आडावपी कवाड; कळ.

vamp (n) दादल्यांक भुलोवन फायदो काडपी बायल; आपलो हेत सादूंक दादल्याक आपल्या जाळ्यांत फारावपी बायल; □ कपयो, थिगळां लावन नवी केल्ली वस्त; □ बुटा मुखावयली सोंड.

vampire (n) मनशाचें रगत पियेवंक रातीवेळार भोंवपी भूत (एक कल्पना); दुर्बळांक पिळपी मनीस; रगत चिंवपी वागोळें.

van (n) (घो) व्हॅन; म्हालाची हाड-व्हर करपी वाहन.

vandal (n) समाजविद्वाटो; वाटलायणो; खासगत वा भौशीक बऱ्याबऱ्या वस्तूंची नाशाडी करपी व्यक्ती.

vane (n) वाऱ्या-बावटो; वाऱ्याची दिशा दाखोवपी पातें; पत्र्याची शीर; वाऱ्या-कोंबलो.

vanguard (n) फौजेचो मुखावयलो भाग; सैन्याची फुडली रांक; □ चळवळीचो फुडारी; मुखेली; □ आघाडी; फुडो; मुखावयली वट; दर्शनी भाग.

vanilla (n) (घो) वॅनिला; रूच आनी वासाचो अर्क; वॅनिला (आयसक्रीम).

vanish (v) अचकीत ना जावप; दिसनासो जावप; नदरेआड वचप; विलीन जावप.

vanquish (v) झुजांत, सर्तीत हारोवप; भासाभाशेंत हारोवप; जैत जोडप; पराभव करप.

vantage (n) वरतेपण; वरिश्ठपण; वर्चस्व; आदाव; फायदो; मानाची, आदावाची सुवात.

vapid (adj) पचपचीत.

vapour (n) वाफ; ऊब; धुकें; • **(v)** वाफ जावप; • **vaporization (n)** वाफेंत रुपांतर.

vary (v) बदलप; बदल करप; वेगळो आसप, जावप; तरातरांचो जावप; (खराय) वाडप, देंवप; • **variable (adj)** (हवामान) बदलता तसलें; (सभाव) चंचल; चवचाल; थिराय नाशिल्लो; • **variance (n)** फरक; अंतर; मतभेद; विरोध; वाद; दुस्मानकाय; • **varied (adj)** विंगड विंगड रुपांचो; रंगारंगांचो; विविधताय आशिल्लो; बदलपी.

variegate (v) रंगीबेरंगी करप.

variety (n) विविधताय; जिनसांवार जाती; तरातरांचे प्रकार; तरेकवार जिनसांचो सांठो; तरेकवार कार्यावळ.

various (adj) तरेकवार; जिनसांवार; जायत्या तरांचो.

varnish (n) (घो) वारनीश; (फर्निचराक बी) लकलकसाण दिवपी लेप.

vase (n) पात्र; आयदन; कुंडी; फुलपात्र; फुलदाणी; व्हाज.

vaseline (n) (घो) वाझेलीन.

vassal (n) रयत; कूळ; खंड घालपी;

तोल्ल; □ दास; नोकर; पांगेंतलो; □ पांगी राष्ट्र.

vast (adj) आकागन, संख्येन बी खूब व्हड; विस्तीर्ण; लांब-दिग.

vat (n) मोटें बल्ल; टांकी.

vault (n) घुमटचें पाखें; □ मोलाच्यो वस्तू दवरपाचो गडगांज तिजोरी, सुवात; भुंयारी कूड; □ ऊच उडी; लाग; • (v) बडयेच्या आधागन ऊंच लाग मारप.

vaunt (n) बडाय; झेंत; • (v) बडायो मारप; फकयो मारप; बोकडे मारप; • **vaunter** (n) बडायो मारपी.

veal (n) पाडकाचें लुसलुशीत मास.

veer (n) दिशा बदलप; फाट पालप; मत बदलप; (वाहनाचे) अचकीत घुवप.

vegetable (n) पालेभाजी, शाकभाजी, कदमूळा, कडडण बी; • **vegetarian** (adj) शिवगाक (जेवण); शिवगाक जेवण जेवपी (नुसतें, मास खायना तमलो).

vegetate (v) किल्लप; कोंबेवप; आकोबप; वाडप; □ आळसायेन, सुस्तीन, जडायेन दीस सारप.

vehement (adj) त्विर; नेटाचो; तडाक्याचो; मणसणीत; झणझणीत.

vehicle (n) (चक्राची) गाडी; वाहन; घांवतें; □ माध्यम; आधार; साधन.

veil (v) पडड्यान घांपप; गुठलावप; बुरखो घालप, घेवप; लिपोवप; • (n) ओडणी; ओल; पदर; बुरखो; □ पडडो; पागरूण; □ नीब; निमित्त.

vein (n) रगताची शीर; नस; पानाची, पाखाची शीर; □ पटो; □ मनस्थिती; प्रवृती; □ आव; ढंग; तरा.

velocity (n) वेग; धाव; गतीचो नेट.

velvet (n) मखमल; विलूद.

venal (adj) खावगो; सुवार्थी; लांच घेवपी.

vend (v) विकप; • **vendor, vender** (n) जिनस विकपी; □ जमनीचो वेवसाय करपी; • **vending machine** (n) पयशे घालेउपरांत जिनस दिवपी यंत्र.

vendetta (n) कूळवैर; जल्माचें वितुश्ट.

veneer (v) सोबितायेपासत लाकडाची नकसूद फाल बसोवप; • (n) (लाकडाचेर लावंक) पातळ थर, फाल; बयलेचागचें रुपडें; मुखडो; लेपड; कलय; थर; भपको.

venerable (adj) पूज्य; नमन करीमारको; संतपद फावो जालां असो; • **venerate** (v) पूज्यभाव बाळगप; वंदप; नमन करप; भक्तीभावान मान दिवप; • **veneration** (n) पूज्यभाव; भक्ती; भोवमान.

venetian blinds (n) उजवाड अदींक उणो करूक जनेलाक बी लायिल्लो नकसूद पातयांचो झड.

vengeance (n) सूड; फारीकपण; आवरणें नाशिल्लो नेट; □ दुस्मानकाय.

venial (adj) उकेखपामारको; भगसुपाचो.

venison (n) मेरवा-मांस.

venom (n) (सोरपाचें, विंचवाचें बी) वीख; □ वैर; दुवेस.

vent (n) वायट हवा, धुंवर बी कुडींतल्यान भायर वचपाक दवरलेली वाट (बुराक); □ ओगाक भायर वचूंक दिल्ली वाट; • (v) ओग काडप.

ventilate (v) वारो घोळपाची मांडणी करप; इबाडिल्ली हवा, धुंवर बी भायर वचपाची तजवीज करप; □ एकादरो प्रस्न चारचौगामुखार दवरप; • **ventilator** (n) वारो घोळूंक वणटीक वा पाश्टाक दवरलेलो बुराक; वाऱ्या-वाट.

ventral (adj) पोटाविशीं.

ventricle (n) खांच; विवर; पोखर; □ कुडीच्या अवयवाक आशिल्ली खांच,

पोकळसाण.

ventriloquism (n) गरुडवाणी; आवाज पयशिल्ल्यान येता असो भास.

venture (v) संकश्टांत उडी घालप; धिटाय दाखोवप; जोखीम घेवप; अवघड कामाचो पत्कर घेवप; धाडस करप; सांगूंक फुडें सरप; धजप; • **(n)** जोखीम; पत्कर; (आंगलट येवं येत अशें) धाडस.

venue (n) सभेची, कार्याची सुवात.

Venus (n) शुक्र गिरो; □ ग्रीक देवता.

veracious (adj) उतराचो प्रामाणिक; सत्यवादी; उजू; (वर्तनान) चोख.

veranda(h) (n) वारांद; वसरो; पडवी; □ वाटसुराखातीर मार्गाकुशींतली पाखें आशिल्ली वाट.

verb (n) क्रियापद; • **verbal (adj)** क्रियापदासंबंदीत; धातूसादीत; □ शाब्दिक; उतरांचो; उतरांपुरतो; गजालींपुरतो; □ तोंडी; शब्दार्थान घेवपाचो.

verbatim (adv) उतरान उतर; त्याच उतरांनी (अणकार बी).

verbose (adj) पाल्लाळीक.

verdant (adj) पाचवोचार; रसरशीत रंगाचो; □ पाचव्या तणान व्यापिल्ली (सुवात); □ संस्कार जावंक नाशिल्लो; कड्डो; नेणार.

verdict (n) निकाल; निवाडो; कौल; □ वस्तुस्थितीचो सरांव घेवन केल्ली मनसुबी.

verdure (n) पाचवीचार वनस्पत, रुखावळ; □ रसणाय; रसरशीत वाड.

verge (n) कांठ; धड; धार; • **(v)** धडेर; शिमेर पावप.

verify (v) नियाळप; खरेपण पारखप; रुजवात करप; पडटाळो घेवप; थिजप; • **verification (n)** पुनर्तपासणी.

verisimilar (adj) खऱ्या भाशेन; खरो आसा ते भाशेन; जिस्त.

veritable (adj) खरो; सत्य; पडटाळो दिवपी.

vermicide (n) दंतांचें वखद; दंतनाशक.

vermilion (adj) तांबडोगुंज; • **(n)** शेंदूर.

vermin (n) सतावपी वा इजा करपी प्राणी, जीव (हुंदीर, घुशी, उयो, किटी, चाबपी किडी बी); □ उणाक, हलकट मनीस.

vernacular (n) प्रदेशाची बोली; थळावी भास; लोकभास; • **(adj)** थळावो; गांवचो;.

versatile (adj) भोवगुणी; जायत्या कामांक उपकरपी; □ कांय न्हय करून विशयांतर करपी; व्याप बदलपी; □ चंचल.

verse (n) कविता; कडवें.

versed (adj) जाणकार; फिशाल; अणभवी.

version (n) एकादरे घडणुकेवयर जणेकल्याचो आपले नदरेंतल्यान नियाळ; □ अणकार; भाशांतर; रुपांतर; तर्जुमो.

verso (n) छापिल्ल्या पानाची फाटली वट; वाचतल्याचे दावे वटेनचें पुस्तकाचें पान; □ नाण्याची फाटली वट.

versus (prep) विरुद्ध; आड.

vertebra (n) फाटीकण्याचो मणको; मणक्याचें हाड; • **vertebrate (adj)** फाटीकणो आशिल्लो.

vertex (n) तेमूक; तेंगशी; शिखर; कळस; सामकें ऊंचलें तोंक; त्रिकोणाचें वयलें तोंक.

vertical (adj) नीट उबो; सरळ; तायट; तळाकडेन, कक्षेकडेन काटकोन सादपी.

vertigo (n) चिनारी; घुंवळ; गिरगीर; चिर्रे करपी आवतिकाय.

verve (n) (साहित्यीक, कलेच्या मळार बी) उर्जा, उमेद.

very (adj) तोच; त्याच; सामको; खरेलो;

• (adv) जायतो; खूब; धे म्हणून; ताकतिकेन; गरजेन; जायच म्हळ्यार.

vesper (n) सांज; आमोरी; आमोरेची प्रार्थना.

vessel (n) आयदन; पात्र; □ मचवो; बार्क; तारू; कोठवो; पातमारी; □ रगताची वी शीर.

vest (n) बानयान; बंडी; • **(v)** (अधिकार) दिवप; सुपूर्द करप; सुवादीन करप.

vested (adj) मालकी हकान वा भोगवट्यान सांबाळ्ळेलो; • **vested interest (n)** (आमपावल्ले, घुसपल्ले) हितसबद.

vestibule (n) बल्काव; पडवी; ओटो; सोपो.

vestige (n) माग; सुल्म; खाणखूण; प्रमाण; छाप; गवाय; चिन्न; अवशेष; • **holy vestige (n)** सासाय.

vestment (n) धर्मीक सुवाळ्या वेळार घालपाचे कपडे.

vet (n) मोनजातीचो वैद्य; • **(v)** मोनजातीक तपासप आनी वैजकी उपाय करप; □ (येवजणेचो, वावराचो वी) बारिकसाणेन अभ्यास करप.

veteran (adj) अणभवी; जाणटो; म्हालगडो; • **(n)** फौजेचो सेवानिवृत्त अधिकारी; फौजेंत वड काळ सेवा केल्लो सैनीक.

veterinary (adj) पशुगेगांसंबदीत.

veto (n) (घो) व्हेटो; नकाराधिकार; मनाय; कायदो करपाक वा लागू करपाक मनाय करपाचो घटनात्मक अधिकार.

vex (v) सतावप; तिडावप; जीव खावप; जळोवप; त्रास दिवप; □ खडपसूक जावप.

via (prep) वटेन; दिशेन; वरवीं.

viable (adj) वेव्हारी; प्रत्यक्षांत येवपासारकें; □ कोंबेवपासारकें; आंकुरपासारकें; □ धरपासारकें; चलपासारकें.

vial (n) वखदाची लहान शिसली.

vibrant (adj) (पातें वी हालता तशें) थरथरपी; (आवाज) घुंवघुंवपी; झंकारपी; • **vibrate (v)** लागून, गतीन फाटल्यान फुडल्यान हालप; घडयाळीच्या घंट्याभाशेन हालप; थरथरप; कानांत घुंवघुंवप.

vicar (n) कॅथलीक पुरयत; इगर्जेचो पाद्री; पादविगार.

vice (n) व्यसन; वायट संवय; दुर्गुण; दुराचार; वीद; नाद; □ पक्कड; गावी; • **(adj)** दुय्यम; उप (अध्यक्ष); (एकादऱ्याचे) सुवातेर काम करपी; • **vice-chancellor (n)** (विद्यापिठाचो) उपकुलगुरू.

vice versa (adj) उरफाटे दिशेन, वटेन.

vicinity (n) शेजार; भोंवतड; लागसारपण.

vicious (adj) (संवय) वायट; □ पातकी; नितीभायगो; □ (व्यक्ती) चरित्रहीन; दुश्ट; □ (वस्त) दोश आशिल्ली; □ (सुणो) आंगार येवपी; घांस मारपी.

vicissitude (n) बदल; नशिबाचो बदल.

victim (n) भकीक पडिल्लो; फटवल्लो; नागवल्लो; बळी; • **victimize (v)** सतावप; दगदगावप; त्रासांत घालप.

victor (n) जैतवंत व्यक्ती वा राष्ट्र; सर्तांत, वादात जिखपी; जैतवंत व्यक्ती; • **victory (n)** जैत.

vide (v) पळय; वाच (संदर्भ).

video (n) टेलिविजन, दूरदर्शन.

vie (v) दुसऱ्याकडेन सर्त करप; जैतापासत, वर्चस्वापासत संघर्श करप.

view (n) नियाळ; नदरेचो आवाठ; आवाठांतलो देखाव; □ (प्रसंगाकडेन पळोवपाची) नदर; • **(v)** नियाळप; हिसबाक

धरप; □ टीवी बी पळोवप.

vigil (n) तेळणी; पारो; जागरण करून केल्ली राखण; कित्याचेरूय दवरलेली गुमानीत नदर; • **vigilance (n)** चत्राय; जतनाय; जागरुकताय; दक्षताय; सादूरपण.

vignette (n) सुंदर शब्दचित्र; सभाव-वर्णन; सोबीत मनभुलयणो देखाव; □ पुस्तकाच्या रित्या जाग्यार छापिल्लें ल्हान चित्र (सोबितायेक).

vigour (n) विरी; रसणाय; हुशारी; उमेद; बळ; त्राण; तवंक.

vile (adj) दुश्ट; हलकट; उणाक; कितेंय करपी.

vilifier (n) कुचाळो; दुसऱ्याक बदनाम करपी; निंदा करपी.

villa (n) गांवांतलें सोबीत घर; वेळेवयलें घर; भोंवतणीं बाग आशिल्लो उपनगरांतलो बंगलो.

village (n) खेडें; गांव; • **village messenger (n)** पारपती.

villain (n) दुश्ट; पाडो मनीस; नाटक-सिनेमांतलो खलनायक.

vincible (adj) हारोवं येत असो (दुस्मान); जैत मेळोवं येत अशें (आडमेळें).

vindicate (v) सारकी गवाय दिवन बगलांट परतवप; आपणालें खरेपण सिद्ध करप.

vindictive (adj) डंखी; सूडभावना बाळगुपी.

vine (n) दाकूंची, द्राक्षांची वाल.

vinegar (n) विनाग्र.

violate (v) कायदो, नेम मोडप; पवित्रताय भंगोवप; आगळीक करप; बलात्कार करप.

violence (n) हिंसा; बळाचो वापर; इजा जायमेरेन मार; □ दर्यांतल्या तुफानाचो सांवार.

violet (n) जांबळो रंग; जांबळीं फुलां दिवपी एक फुलझाड.

virgin (n) कुमारी; ब्रह्मचारिणी; • **(adj)** शुद्ध; पवित्र; निर्मळ.

Virgo (n) कन्या रास.

virtue (n) सद्गूण; बरो सभाव; उजू चलणूक; सचोटी; पावित्र्य; • **virtuous (adj)** गुणेस्त.

virus (n) पिडा-रोग पसरावपी जंतू; रंवथो.

visa (n) (घो) व्हिजा; परदेसांत प्रवेस करपाचें, रावपाचें मान्यताय-पत्र.

vis-a-vis (prep) एकामेकांमुखार; • **(adj)** मुखावयलो.

viscera (n) कुडीभितल्ले अवयव; आंतकड्यो.

viscous (adj) दाट; चिकचिकीत.

visible (adj) दिसपासारको; दिसता तसो; दिसपाच्या आवाठांतलो; • **visibility (n)** दिसणें; दिसपाची परिस्थिती; नदरेमुखावयलें दृश्य; वातावरण.

vision (n) दर्शन; दिश्टावो; फुडाराचें सपन; □ दिसणें; आभास; • **visionary (n)** दृश्टो; दिश्टावो बाळगुपी; दिव्य नदर आशिल्लो; □ निखटीं सपनां पळोवपी; अवेव्हारी.

visit (v) भेट दिवप; मुजरत मेळप; पाचारूंक वचप; • **(n)** भेट; • **visitor (n)** सोयरो; अतिथी; भेटेक आयिल्ली व्यक्ती.

visor (n) (घो) वायझर; हॅलमॅटाचो तोंड धांपपी भाग.

vista (n) पयसुलो देखाव; मार्गाच्या दोशीं वटेंतल्या झाडां मदल्यान दिसपी दृश्य; □ इतिहासाचेर नदर.

visual (adj) नदरेचो, दिश्टी संबंदीत; पळोवपा संबंदीत; □ दोळ्याचो.

visualize (v) कल्पना करप; (जें दिसना तें) येवजणेन पळोवप.

vital (adj) (जिवताक) भारी गरजेचो; चड म्हत्वाचो; • **vitality (n)** जीवसाण; चेतना; विरी.

vitamin (n) (घो) व्हिटमीन; जीवनसत्व.

vitiate (v) खदळ करप; भश्टप; इबाडप.

viticulture (n) दाकूंचें पीक काडपाचें शास्त्र; दाकूंचो अभ्यास.

vitreous (adj) हारशाभाशेन; चकचकीत.

vitriolic (adj) (टिका, उलोवप) लागसारकें; झणझणीत.

vituperate (v) गाळी घालप.

viva (n) तोंडी परिक्षा; • **(int)** सदाकाळ, सासणाचो उरूं!

vivacious (adj) रसगीत; उमेदी; धादोशी; खुशाल.

vivid (adj) (रंग) भडक; गाढ; चकचकीत; □ (उजवाड) पर्जळीत; लकलकीत, □ (मनोस) उमेदी; उर्बत; □ जिती-जागती, जिवो-तरटटीत; □ स्पश्ट.

vivisect (v) अभ्यासाखातीर जीव, प्राणी चिरप.

vixen (n) कोल्ली; □ झगडाळ बायल; झोड.

viz (adv) (videlicet चो संक्षेप) म्हळ्यार.

vocabulary (n) उतरावळ; उतरा-कोठी; उतरा-भांडार; एकादल्या शास्त्राची, वेवसायाची वी खाशेली उतरावळ.

vocal (adj) सुरासबदीत; ताळ्यासंबंदीत; वाचेसबदीत; □ गावपाचो; गायनाचो; □ स्पश्टवक्तो; □ आकस्ताळो; बोबाटो.

vocation (n) खाशेलो धंदो, वेवसाय; सेवाधर्मिक वावर; देवाक जाय अशें भावनेन पत्करलेलें काम; • **vocational guidance (n)** आवडीच्या वेवसायधंद्याविशीं मार्गदर्शन.

vociferous (adj) आड्डुगी; बोबमारो; (जमो) किळांची, हुयेली मारपी.

vogue (n) त्या त्या काळांतली लोकांची आवड; फॅशन; (कसलेय गजालीचो) नाद; पिशें; • **in vogue** चालू फॅशन.

voice (n) आवाज; ताळो; सूर; स्वर; □ मत.

void (adj) पोको; रितो; जातूंत कांय ना असो; □ कायद्यान बांदिल्लो ना असो; □ (जागो) जंय कोण रावना असो; रिकामो; □ व्यर्थ; निश्फळ; • **(n)** रितो सुवात; पोकळसाण.

volatile (adj) जाचें गोखडेच वायूंत रुपांतर जाता असो; चंचल.

volcano (n) ज्वालामुखी; जाळमुख.

volition (n) इत्साशक्त; संकल्पशक्त; □ समजून-उमजून धारावणी घेवपाची ताक.

volley (n) फाराचो मारो; फारार फार; □ शिवर; तडाको.

voltage (n) विजेचो एकदर दाब.

volte-face (n) तोंड उरफाटे दिशेक करप; □ अचकीत पक्ष-बदल; भूमिका-बदल.

volume (n) घनताय; वस्तूचे लांबाय, रुंदाय आनी ऊंचाये भितर आसपावल्लो आवाठ; □ वाडाय; मोटाय; विस्तार; □ लोट; □ ग्रंथ; पुस्तक; □ खिस्तींनी छापिल्ल्या ग्रंथाचो एक भाग; • **voluminous (adj)** आकारान, संख्येन बी खूब वाड; कितलेशेच ग्रंथ जावये इतली बरपावळ.

voluntary (adj) स्वयंसेवी; आपखोशयेचो; जाय म्हणून पत्करलेलो; • **volunteer (n)** स्वयंसेवक; आप-वावुरपी; • **(v)** आपणें जावन सेवा करूंक फुडें सरप; □ फौजेंत आपखोशयेन नांव दिवप.

voluptuous (adj) भोगी; लापीट; कुडीच्या सुखाक संवकल्लो.

vomit (v) ओंकप; • **(n)** ओंक; उलटी.

voracious (adj) खावगो; भकारो; अधाशी; ल्हेंवटो; □ जाची भूक भागना असो; अतृप्त; □ खूब वाचन करपी.

vortex (n) उदकांतलो भोंवरो; वाऱ्याची वाटोळी; वावटळ; गिरगिरें.

votary (n) भक्त; भगत; उपासक; पाठलावदार.

vote (n) (वेंचणुकेंत बी दिवपाचें) मत; मतदानाचो अधिकार; □ (आभाराचो) थाराव; • **(v)** मत दिवप; मतदान करप; • **voter (n)** मतदार; मतदान करपी.

vouch (v) खरेपण दिवप; प्रामाणिकपणाची गवाय दिवप; पत्कर घेवप; भरवंसो दिवप.

voucher (n) (घो) वावचर; दुडू दिल्यात वा घेतल्यात म्हणपाची पावती; बरयल्ली पावती; □ कुपन.

vow (n) व्रत; आंगवण; पण; सोपूत; उतर; सांगणी; • **(v)** आंगोवप; सोपूत घेवप; पण करप; □ धमकी दिवप.

vowel (n) (भाशेंतलो) स्वर; सूर.

vox populi (n) प्रजेचो आवाज; जनमत.

voyage (n) समुद्रयात्रा; दर्यांतली लांब भोंवडी; दीर्घ प्रवास.

vulcanize (v) रबराचेर खास संस्कार करप.

vulgar (adj) असभ्य; उणाक; पांवड्यान सकयल्लो; □ चालंत; सर्वसामान्य.

vulnerable (adj) कंवळो; नाजूक; चड संवेदनशील; सोपेपणीं भेदूं येता असो.

vulpine (adj) कोल्याभाशेन; धूर्त; चलाक.

vulture (n) गीद; हिरांटो; □ (मनीस) सामको सुवार्थी; आपलें सादोवंक कितेंय करपी.

W w

W w रोमी अक्षरमाळेचें तेविसावें अक्षर.

wad (n) कापसाची, काथ्याची, तिरांट्यांची बी गादी, पेळी, लेपडी बी (कसलेय पैकींग करतना घटमाणी पासत वापरपाची); गुड्डो (तूब बंद करूक उपकरावपाचो); (नाटाचो) पेळो; • **wadding (n)** कापूस, काथो, तिरांटे बी (पैकींग करतना वापरूंक).

waddle (v) थोलत-थोलत वचप.

wade (v) उदकातल्यान, चिखलातल्यान कश्टान वचप; □ अडचणीतल्यान वाट काडप; □ नेटान वावराक लागप.

wafer (n) (घो) वेफर; मान; पातळ विरविरीत बिस्कूट.

waffle (v) अर्थ नाशिल्लें बडबडप; भरभरप; पोक्यो लातबडायो मारप.

waft (v) उफेत वा उबत अचळय वचप, व्हरप; • **(n)** वासाचो घमघम.

wag (v) (शेपडो बी) वयर सकयल, हेवशीन तेवशीन हालयत रावप; (व्हयकार दाखोवंक) तकलो वा बोट हालोवप; • **(n)** फकाणेर.

wage (n) मजुरी; मुशारो; दिसवडो; पाग; □ पानवळ; • **(v)** झूज सुरू करप; चालू दवरप, आधारप.

wager (n) पैज; होड; वडा; • **(v)** पैज मारप.

waggle (v) मोडत चलप; वयर-सकयल, फाटीं-फुडें जावप.

wagon, waggon (n) (घो) वॅगन; (रेल्वेची) वागीण; म्हाल ओडपी गाडी.

waif (n) मांडिल्लें, अनाथ भुरगें; जाचो धनी कोण तें खबर ना अशी वस्त; बरपी ना अशी बरपावळ (ओपारी, म्हणी बी).

wail (v) विकळापप; होळम घालप; हुयेली मारप; • **(n)** विकळाप; होळम; हुयेली; □ वाऱ्याचो काळीज कातरपी आवाज.

waist (n) कमर; हाड; □ शिविल्ल्या कपड्यांचो कमराचो भाग; □ तारवाचो मदलो भाग; • **waistcoat (n)** जाकीट.

wait (v) एकाच जाग्यार रावप; रावन वाट पळोवप; □ कळाव करप, जावप; तिश्टप; □ वाडपाचें काम करप; हॉटेलांत वेटराची चाकरी करप; सेवेक हाजीर रावप; • **(n)** कळाव; तिश्टत; • **waiter (n)** (घो) हॉटेलांतलो वेटर; • **waiting list (n)** सुवातो भरले उपरांत उरता ती वरकड नामावळ.

waive (v) (अधिकार) सोडप; त्यागप; कायदो, हयास्त रद्द करप; वर्जप.

wake (v) (न्हिदेंतलो, न्हिदेउपरांत) उठप;

उठोवप; जाग येवप; जागोवप; सुस्ती, आळसाय सोडप; जागरूक रावप; • **(n)** बोट वतना उदकांत जाता ती फेणाची रेग; • **wakeful (adj)** जागो; जागो राविल्लो; जाका न्हीद पडना असो; न्हिदूंक नाशिल्लो; □ जागरूक; सादू; • **waken (v)** न्हिदिल्ल्याक उठोवप; (सुस्तेंतल्यान बी) जाग हाडप; • **wake up (v)** (घडणुकेची) चत्राय, नोंद घेवप; जाग आसप; तयार रावप.

wale (n) चाबकाचो वळ; दाग; गांज.

walk (v) पांयांनी चलप; चलोवप; भोंवडावप; पासय मारप; • **(n)** फेरी; पासय; • **walk over (n)** सोंपेपणीं जोडिल्लें जैत (जंय एकूच स्पर्धक येवन वांटो घेता आनी म्हणून तोच जिखता).

walkie-talkie (n) (घो) वॉकी-टॉकी; (पोलिसांचो) संदेश दिवपा-घेवपाचो रेडियो.

wall (n) वणत; पारो; दुरीग; पागार; • **(v)** वणत बांदप; • **wall recess (n)** कत्रेल; कुर्कूट; • **wallpaper (n)** वणटीर मारपाची सोबीत फोल.

wallet (n) चामड्याचें बोल्सांत दवरपाचें पाकीट (नोटी बी दवरपाचें).

wallop (v) धाडावप; धोडावप; पेट दिवप; • **(n)** नेटाचो धपको.

wallow (v) रेबकोंडांत लोळप; • **(n)** रेबकोंड.

walnut (n) अक्रोड (झाड, फळ, मदेर).

waltz (n) जोड्यान करपाचो एक परदेसी नाच; ह्या नाचाचें संगीत.

wan (adj) निस्तेज; पिडेस्त कसो; धवपाण पडिल्लो; □ (रंग) फिकट; (उजवाड) मंद.

wand (n) शिट्टी; बेतकाठी; जादुगाराच्या हातांतली कांडी; अधिकाऱ्याचें रोत.

wander (v) हेडप; कारणाविणें खंयूय भोंवप; आडवाटेन वचप; □ (मन) थाऱ्यार नासप; गोंदळप; • **wanderlust (n)** हेडपाची, भोंवपाची आवड, नाद, पिशें.

wane (v) (चंद्राचें) भागत वचप; देंवती कळा लागप; तेज उणें जायत वचप.

wangle (v) नाडप; (फटोवन) हातासप; लुबाडप; हिकमतीन मेळोवप.

want (v) जाय आसप; जाय पडप; गरज लागप; इत्सा जावप; उणाव जाणोवप; उणें पडप; • **(n)** गरज; उणाव; तूट; □ गरिबी; • **wanted (adj)** गुन्याव केल्ल्याचो आरोप आशिल्ल्यान पोलिसांक जाय अशी (व्यक्ती); □ नोकरेपासत जाय अशी (व्यक्ती).

wanton (adj) (जाका कितेंय करूंक) कारण लागना असो; बेबंद; गरजेभायर क्रूर; □ भायली वीद लागिल्लो; वांकड्या वर्तनाचो.

war (n) झूज; लडाय; झगडें; मारामारी; फार-पेट; • **warlike (adj)** झुजाची खुमखुमी, फुरफुरो आशिल्लो; • **warfare (n)** झूज चलता अशी परिस्थिती; झूज; झगडें; • **warmonger (n)** झूज-नादी; झुजापासत शिंवशिंवपी (मनीस वा राष्ट्र); • **warrior (n)** झुजारी; सैनीक; फौजी; • **warship (n)** झुजा-तारूं; युद्धनौका.

warble (v) (शेवण्याचें) थरथरत्या आवाजांत गावप.

ward (n) शाराचो, गांवचो वाडो; हॉस्पिटलांतलो विभाग; बंदखणींतलो खण; □ पालकाचे वा न्यायाधिशाचे राखणेखाला आशिल्लें भुरगें, भुरगो; □ चावयेचो कातरो.

ward off (v) पेल्यान धुकलप; परतवप; पयसावप; फापडून उडोवप.

warden (n) (इमारतीचो, विद्यालयाचो, हॉस्टेलाचो बी) कारभारी; जाळवणदार.

warder (n) कादयेचो कारभारी.

wardrobe (n) (घो) वॉर्डरोब; कपडे, न्हेसणां बी दवरपाची आरमार; कपड्यांचो सांठो.

ware (n) एकेच जातीच्यो तरेकवार वस्तू (रुपावत, घरवत बी); • **wares** (n) विकऱ्याचो म्हाल.

warm (adj) हून; उबेचो; उबाळाचो; □ मायेस्त; मोगाळ; □ (गजाली) चुरचुरीत, हुनहुनीत; • (v) (उदक बी) तापोवप; ऊब दिवप; हुनसाण दिवप; • **warmth** (n) ऊब; हुनसाण.

warning (n) शिटकावणी; धेंक; हिसारो.

warp (v) (लुगट) आटिल्ल्यान वाकडे-तिकडे जावप, वयणप; (मन) निर्शेवप; • (n) लुगटाची उबी वीण; उबें सूत; धागो; □ राजू; आंजो.

warrant (n) (घो) वॉरंट; अधिकार-पत्र (घर तपासूक, दुबाविताक धरूक, पयशे घेवंक-दिवंक दिल्लें).

warranty (n) (घो) वॉरंटी; विकिल्ले वस्तूविशींचे हमी-पत्र; भरवसो-पत्र.

wart (n) चामखीळ.

wary (adj) शिटूक; चारकडेन नदर दवरपी, चत्रायेन रावपी; पाळटेर रावपी

wash (v) न्हावप; धुवप, निवळ करप; उमळप; • (n) न्हाण; निवळण; □ उदकान येवपी निवळसाण; □ धुवपाचीं वस्त्रां; उमळचीं, ओलीं; • **washable** (adj) (वस्त्र) धुवक जाता, उदकांत काढल्यार इबाडना अशें; □ **washed cloth** (n) उमळें; • **washing-machine** (n) वस्त्रां धुवपाचें यंत्र.

washer (n) (घो) वॉशर, वायसर; मदीं बुराक आशिल्ली बारीक चाती (नळाक बी घालपाची).

wasp (n) कुमात्र; एके जातीचो गांजील.

waspish (adj) (मनीस) रोखडोच तिडपी, खुबपी; तोपून उलोवपी; दुखोवपी; केणपी.

waste (v) कशाकशें वापरून इबाडप; □ (संद) वगडावप; कशाकशें खर्चप; • (n) नश्टखर्च; इबाड; लुमकान; नाशें; □ उश्टें; उरिल्लें; □ कावल; □ कोयर, हळशीक, घाण बी; □ (जमीन) पडंग; वशाड; □ कमर; भेंड; • **wastage** (n) वापरून, झरिल्ल्यान, इबाडिल्ल्यान व्यर्थ गेल्लें कितेय; इबाड.

watch (v) म्हऱ्यांतल्यान लक्ष दिवन पळोवप; नदर दवरप; लक्ष दवरप; जतनायेन सांबाळप; • (n) घडयाळ (हाताची, बोल्सातली); □ राखण; पाळत; तेळणी; □ राखणदार; • **watch-dog** (n) राखण करपी सुणो; □ (नदर दवरपी, राखून आसपी) व्यक्ती; समिती; • **watchful** (adj) शिटूक; सादूर; जागरूक; चत्राय बाळगुपी; □ जागो; • **watchman** (n) (घो) वॉचमन; इमारतीची बी राखण करपी नोकर; (राखणदार) गुरखो; • **watchword** (n) नारो; घोशणा; संकेत-शब्द; बऱ्या-वायट वावराक लोकाक लागीं हाडपी उतरा-हालेट.

water (n) उदक; (हॉटेलांत पियेवपाचें) पाणी; (दर्याचें) पाणी; • (v) उदक घालप; उदकान शिपप; □ लाळ येवप; (दोळे) भरून येवप; • **sweet water** (n) सावें उदक; • **sweet water fish** (n) सावें नुस्तें; • **waterfall** (n) घसघसो; धबधबो; वयल्यान खाला पडपी उदकाचो मोटो लोट; • **waterfront** (n) शारांतल्या धक्याची सुवात; दर्यादिगेवयलो वसतेचो वाटार; • **watering can** (n) रेगादोर; झारी; झाडां शिपचेलें आयदन; • **water-line** (n) तारवाचो

उदकांत बुडटा तितले मेरेनचो भाग दाखोवपी रेग; • **water-melon (n)** काळींग; • **waterproof (adj)** जातूंत उदकाक रीग मेळना असो; उदक लागल्यार इबाडना असो; • **waterworks (n)** वसतेक उदका-पुरवण करपी यंत्रणा; □ कारंजीं, रंगीत बी फवारे; • **watery (adj)** उदकासंबंदीत; □ भरिल्ल्या दोळ्यांचो; □ अशक्त; बारीक; □ उदकांतलें (मरण).

watt (n) (घो) वॉट; विजेची युनीट.

wattle (n) वंय; वंय बांदूंक उपकरायल्लें सामान; □ (कुकडांची) पांज; □ शेवणीं, शेड्डे बी हांच्या गळ्याकडली मिरयो पडिल्ली कात; • **(v)** वंय बांदप.

wave (v) (बावटो बी) हेवटेन तेवटेन हालोवप; (वाऱ्यार) धोलप; उबप; ल्हारेवप; □ हात हालोवप (हडकप); □ (केंस बी) कोंगरे करप; • **(n)** दर्याचें ल्हार; वाऱ्याचें ल्हार; शिंयाचें ल्हार; □ अचकीत जाल्ली वाड; • **wavy (adj)** ल्हारांभाशेन; कोंगरे; मुदयाळे.

waver (v) अनमनप; फाटीफुडें येवप, जावप; कितेंय करचें काय ना हे येवजणेंत घुसपप; गोंदळप; □ उजवाड मिणमिणप; • **(n)** अनमनणी; □ वृत्तीन धरसोड मनीस.

wax (n) मेण; लाख; □ कानांतलो चिखल; • **(v)** लाखेचो वर्ख, लेप दिवप; □ (चंद्र) कळाकळांनी वाडप; □ मोटो, बळिश्ट जावप; • **waxwork (n)** लाखेचें सोबीत काम; मेणाच्यो वस्तू.

way (n) पद्दत; रीत; साधन; दिशा; वाट; पायण; अंतर; प्रवास; □ सभावगूण; • **ways (n)** संवयो; • **way out (n)** निस्तर; • **waybill (n)** म्हालाबरोबर धाडिल्लो आंकडो; • **waylay (v)** पाळटेर रावन उडी घालप; वाटमारी करप; वाट आडावन घात करप; • **wayside (n)** मार्गाची कड; मार्गाकुशींतलो वाटार; • **wayward (adj)** पारपोळ; हूड.

weal (n) चाबकाचो वळ; □ (लोकाचें) कल्याण.

wealth (n) धनदौलत; श्रीमंती; गिरेस्तकाय; संपत्ती; आसपत; मुदगो; ऐवज; • **wealthy (adj)** गिरेस्त; ताण; श्रीमंत; दुडवांकार; धनदौलतीन उपाट.

wean (v) भुरग्याक, पिलाक दितात तें आवयचें दूद तोडप; □ नसत्यो संवयो मोडप.

weapon (n) शस्त्र; हत्यार; आयूद; आवत; □ प्राण्यांचीं झगडटना वापरपाचीं आंगां (दावकुलां, बोचकुलां, शिंगां, सुळे बी).

wear (v) (कपडे) न्हेसप; (वस्ती) आंगार घालप; (आंगार) धारण करप; □ वापरून झरप, झरोवप; • **(n)** झीज; झरणी; झरून, वापरून जाल्लो इबाड; • **wear and tear (n)** वापरून बी जाल्लो इबाड.

weary (adj) जाका सामकें पुरो जालां असो; थकिल्लो; भागिल्लो; खरशेल्लो; वाजेल्लो; उबगल्लो; □ पुरो करपी; कश्टोवपी; • **(v)** वाज हाडप; बेजार करप; अस्वस्थ जावप, करप.

weasel (n) मुंगसाभाशेन एक प्राणी; □ घातकी मनीस.

weather (n) हवामान; तापमान; हवा; ताप; थंडसाण; हवामानाचो अदमास, अंदाज; • **(v)** हवेचो परिणाम जावप वा जावंक दिवप; □ संकश्टाक, वादळ-मोडाक फुडो करप; □ वाऱ्याचे दिशेन तारूं ताणप; • **suffocating weather (n)** दमट; गुजगूज.

weathercock (n) कोंब्यारुपाचो वारें-निदर्शक; □ चंचळ; अस्थीर मनाचो मनीस.

weave (v) लुगट मागार विणप; □ मावलेन जाळें करप; □ रेंद विणप; विणकाम करप.

web (n) विणिल्ली वस्त; □ माळयाचें, मावलेचें जाळें; रसमी किड्याचें जाळें; घयगांव; □ कागदाचें कडलें गैळ; □ घुसपण.

wed (v) लग्न जावप; काजार जावप; शादी करप; लग्नसंबंद जोडप; • **wedding** (n) लग्न; विवाह; काजार; शादी; • **wedlock** (n) लग्न; विवाह-बंधन; लग्नाचो बांदपास.

wedge (n) पाचर; चिमरी; कचर; माकडी; फुकटी; कचारी; □ वेगळेचार करणी; वितुरट हाडपी येवजण वा करणी; • (v) पाचर, माकडी मारप.

Wednesday (n) बुधवार.

wee (adj) सामको लहान, बारीक; कुसकूट कसो.

weed (n) नडणी; □ किडकिडीत हाडकुटो मनीस; • **weed out** (v) नडणी काढप; नेमावप; तण तासप; □ नाका जाल्लें नश्ट करप; हुमटून काढप.

week (n) सप्तक; सुमान; सात दिसाचो हप्तो; • **weekday** (n) सप्तकातलो वावराचो खयचोय दीस (सुटी ना असो); • **weekly** (adj) सात दिसाचो; दर सप्तकाचो, सप्तकी; • (n) सप्तकी नेमाळें; सातोळें; • **weekend** (n) शेनवार-आयतार; शुक्रार रातीसावन आयतार सोंपमेरेनचो काळ.

weep (v) रडप; दुकां गळोवप; • (n) रड.

weevil (n) टोको; फळातलो जीव.

weigh (v) वजन काडप, घेवप, आसप; जोखप; काटयार घालप; □ भार घेवप, पडप, घालप; □ जोखून विचार करप; □ (तारवान) नांगर उबारप; • **weighbridge** (n) (घो) वेब्रीज म्हालान भरिल्ले गाडयेचें वजन काडपाचो कांटो; • **weight** (n) वजन; □ जुलूम; जडसाण; □ म्हत्व; बळ; प्रभाव; • **weighty** (adj) जड; भारादीक; म्हत्वाचो; वजन, प्रभाव पडसारको; भारदस्त.

weir (n) व्हाळाक बी घाल्लो बांद; नुस्तें घंक्क घाल्ली मानस.

weird (adj) अजापाचो; विक्षिप्त; भयांकृत; गूढ.

welcome (adj) (सोयरो) येवकार दिवपामारको; खोसदिणो; पुराय मान्यताय आशिल्लो; • (n) येवकार; • (int) सुस्वागतम !; • (v) येवकार दिवप.

weld (v) पासप; जोडप; एकजीव करप.

welfare (n) कल्याण; (सगल्यांचें) बरेपण; खुशाली; • (adj) कल्याणकारी (येवजण).

well (n) (उदकाची, तेलाची बी) बांय; □ उदकाचो वझरो; □ इमारतींमदलें खोल आगण; • (adj) बरो; खुशाल; आरोग्यान बरो; बऱ्याचो; शाणपणाचो; • (adv) बरे भाशेन; सुखसमाधानान; • **well-being** (n) खुशाली; बरेपण; भलायकी; सुख-समाधान; कल्याण; हीत; सुख.

well-built (adj) जायेसान लांबस्द; हाडापेरान घसघशीत; बांदावळीन खडेगांठ.

well-informed (adj) जायतीं म्हायतीं आशिल्लो; जायत्या विशयांचो जाणकार; माहितगार; बहुश्रुत.

well-known (adj) नांवाजतो; नामनेचो; फांकी; फांकीवंत; सुप्रसिद्ध; जाका चारचौग वळखतात असो; जो जायत्या जाणांक खबर आसा असो.

well-off (adj) (व्यक्ती) दुडवांकार,

आस्तिक; (परिस्थिती) साय-संगीत.

well-to-do (adj) (दुडवांनी) गिरेस्त; रुचन-पिवन सुखी; जाका उणाव ना असो.

well-wisher (n) बरें मागपी; हितचिंतक.

welt (n) बुटाचो तळ आनी वयलो भाग हांकां जोडपी गोट.

welter (v) रेब्यांत, रगताच्या कोंडांत बी लोळप; • **(n)** धुसपागोंदळ; खतखतें; खिचडी (सरभरस).

wen (n) माथ्याचें कट्टूल.

west (n) अस्तंत दिशा; पश्चिम; सूर्य धारेक वता ती दिशा; पडटी; □ अस्तंत वाटार; • **the West (n)** अस्तंतेचे देश (येवरोप, अमेरिका बी); • **westernize (v)** अस्तंतेच्यो चाली-रिती आपणावप, लागू करप; अस्तंतीकरण करप.

wet (adj) ओलो; भिजिल्लो; शेळ आयिल्लो; सुकूंक नाशिल्लो; □ पावशी; □ जंय सोरोबंदी ना असो वाटार; • **(v)** भिजोवप; ओलो करप; उदकांत काडप.

wet-nurse (n) भुरग्याक आंगावयलें दूद दिवंक नेमिल्ली बायल.

whack (v) झणझणीत धपको हाणप; • **(n)** नेटान हाणिल्लो धपको; धपक्याचो झण्ण आवाज.

whale (n) दर्यांतलो एक व्हड प्राणी; देवमासो.

wharf (n) बोटीचो धको; बंदर; • **wharfage (n)** धक्याचें भाडें; बोटी उब्यो करपाची बंदरांतली सुवात.

wheat (n) गंव; गंवांचें रोप; • **wheatish (adj)** गंवाभाशेन (रंग).

wheedle (v) दुसऱ्याक फुसलावन, चण्याझाडार चडोवन, फुलां माळून आपलें काम सादोवप.

wheel (n) (घो) व्हील; रोद; □ चक्र; चाक; • **(v)** चक्राभाशेन घुंवप; भोंवाडो मारप.

wheelbarrow (n) फुडें चक्र आनी फाटल्यान दोन दोंके आशिल्लो गाडो (खडी, फातर बी हाड-व्हर करूंक वापरतात).

wheelchair (n) (घो) व्हील चॅर; पिडेस्ताक बसपाचें चक्रांचें कदेल.

wheeze (v) ताळ्याकडेन कोंकों जावप; • **(n)** (भरण्याचो) कोंकों आवाज.

whelp (n) सुण्याचो, कोलसुण्याचो बी पेटो; शिंवाचो, वागाचो बी पिलो; □ बाबुलो; • **(v)** वियेवप; जल्म दिवप.

wherry (n) तार; पनेळ.

whet (v) शस्त्र पाजप; साणीर घांसून शस्त्राक धार काडप; □ रूच, इत्सा मातोवप; बळ वाडोवप; • **whetstone (n)** साण; धार काडपाची फातर.

whey (n) धंयांतली निवळी.

whiff (n) फूक; वाऱ्याचो झोत; झुळूक; झोतावांगडा येवपी वास; □ सुसकार, हुसकार; □ विडी-सिगाराचो भपकारो.

whim (n) कूय; हुकी; कींव; □ अचकीत कितेंय करपाचें मनांत आयिल्लें कोल्ल; • **whimsical (adj)** कोल्ली; विचित्र; मनाक मारता तें करपी.

whimper (v) हुडक्याहुडक्यांनी रडप; करंदाय करप.

whine (n) हुयेल; पिरंगण; परवण (यंत्राची) घोंगेवणी; □ पारव्याचें बी रडप; (कुर्दुर कुर्दुर); • **(v)** पिरंगप; परवंप.

whip (n) चाबूक; अंकूश; □ राजकी पक्षाचो प्रतोद; प्रतोदान काडिल्लो हुकूम.

whirl (v) गिरगिरप; नेटान वाटकुळें घुंवप, भोंवर मारप; □ घुंवडावप; तकली गिरगिरप; घुंवळ येवप, येताशी दिसप; □ कांचवेवप; • **(n)** भोंवताडो; • **whirlpool (n)** उदकांतलो भोंवरो; काळाचो फेरो;

• **whirlwind (n)** चक्रीवादळ; तुफान; मोड.

whisk (n) पिसोणी; पिशोल; □ फेसणी (तांतयांचो बोळ फेसपी); □ तणाचो, कड्डाचो वेडो; • **(v)** झट करून पुसप, व्हरप, वचप, वावडप; □ तांतयांचो बोळ फेसप.

whisker (n) माजर, हुंदीर हांच्यो लांब मिशयो; □ गले; कल्ले.

whisper (v) कानांत फुतफुतप; असवडीं ल्हवू उलोवप; □ पानांचें ल्हवू सळसळप; • **(n)** फुतफुतून केल्लें उलोवप; (पानांचो वी) सळसळ आवाज; • **whispering campaign (n)** चाडयो; धवळे.

whist (n) इस्पिकांचो एक खेळ.

whistle (n) पिल्लूक; शिळोणी; शिटी (कुकराची वी); • **(v)** पिल्लूक वाजोवप; शिळोणी घालप; शिटी जावप.

whit (n) कूस; कुसकूट; कण; (पतीक : कुसकूट लेगीत खरें न्हव).

white (n) धवो रंग; गोरो मनीस; □ तांतयांतलें धवें; □ दोळ्यांतले मंडोळेभोंवतणचो धवो भाग; • **(adj)** धवो; गोरो; □ (बरो नाशिल्ल्यान) धवपाण पडिल्लो; • **whiten (v)** धवो करप; • **whitewash (v)** वणटीक चुनो काडप; □ काळ्या कर्तुबांचेर पड्डो घालप.

white ant (n) वायटी; वाळय; ओळमो.

white-collar (adj) धवाडो; बसून काम करपी (लोक); मध्यम (वर्ग).

white coloured man (n) पाखलो.

white elephant (n) धवो हती (हाका पवित्र मानतात); सांबाळूंक, पोसूंक कठीण अशी मोलाची वस्त.

white flag (n) धवो बावटो; झुजांत हार मानले उपरांत दाखोवपाची खुणा.

white lie (n) वेळ मारून व्हरपापुरतें तड्डक.

white paper (n) श्वेत पत्रिका; खाशेल्या विशयाचेर सरकारी धोरण विसकावन सांगपी अधिकृत निवेदन.

whitewood (n) वजनान ल्हव लाकूड (पोंगरो वी).

whittle (v) पिसकातयेन, चाकवान, सुरयेन तासप, सोलप, पेसप.

whiz (v) बाण कसो झूंऽऽ सूंऽऽ आवाज करीत वचप.

whole (adj) सगलो; सगल्यासगलो; सगट; पुरतो; पुराय; एकांदर; • **whole-heartedly (adv)** काळजाधावन; खोशयेन; मनस्पुर्वेक; • **wholesale (adj)** ठोक (व्यापार वी); • **wholesome (adj)** भलायकेक बरें; पथीक; हिताचो; (भलायकी बरी आशिल्ल्यान) दिमूंक रसशीत; (दूद) जांतलें कांय काडूंक ना अशें; • **wholly (adv)** पुराय; पुरायेन; पुरतेपणीं; • **(adj)** सगल्यासगलो; सामको.

whoop (n) जैताची, खोशयेची आरड, हालेट; राखण्यान घाल्ली कूय; □ कूय; □ खोंकली; खांक; कोलेखांकीचो कूय, कूय आवाज; • **(v)** कूय घालप; हालेट मारप; खांकप.

whore (n) शिंदळ; वांकडे चालीची बायलमनीस.

whorl (n) वलय; देंटाभोंवतणचें पानाचें वाटकूळ; बोटावयलीं चक्रां.

wick (n) दिव्याची वात; (मेण) वात; • **charred wick (n)** काजुलो.

wicked (adj) नश्टो; पाडो; दुश्ट; आगळिको करपी; □ (अपुबयिन) बंट; मस्तेखोर.

wicker (n) वेत; वेळ; • **wickerwork (n)** वेताच्यो, वेळाच्यो

वस्तू (तटे, सुपां, हांतर, फर्निचर बी).

wicket (n) क्रिकेट खेळांतलीं तीन दांडलां मदलें एक (स्टंप); धांवपट्टी; गडो बाद जावप; □ वाड्याच्या व्हडल्या दरवट्याक केल्लें ल्हान दार; □ तिकेटी बी विकपाचें जनेल, कुर्कूट.

wide (adj) रुंद; आवाठान व्हड; सताड; सामको (उकतो); उकतो, (क्रिकेट बॉल) कुशीक मारिल्लो; • **widespread (adj)** सगलेकडेन पसवल्लो, पातळ्ळेलो (रोग); • **width (n)** रुंदाय; दाटाय; मोटाय; विस्तार.

widow (n) विधवा; • **widower (n)** विधूर.

wield (v) (शेक) आसप, चलप, चलोवप; (पेन, तरसाद) वावडप, चलोवप.

wife (n) लग्नाची बायल; घरकात्र; पतीन; पत्नी; भार्या; • **wife whose husband is alive (n)** आयाव; सवाशीण.

wig (n) (माथ्याचें खरड लिपोवंक) केंसांची माथोडी; कांयकडेन जुविजांनी माथ्यार घेवपाचें माथाळें; □ बाब (व्यक्ती).

wiggle (v) कूस परतत रावप; हेवशीन-तेवशीन वळप; उळउळप.

wild (adj) (भूंय) सैमीक अवस्थेंतली; जंय मनीस पावूंक ना अशी; □ (मनीस) रानवट; मनशाळूंक नाशिल्लो; □ धरबंद नाशिल्लो; कशाकसो वागपी; सांवार आयिल्लो; □ अंदाधुंद; स्वैर; • **wild animal (n)** सावद; • **wildcat (n)** बावको; रानमाजर; • **wildfire (n)** वेगान पसरपी उजो; आटापा येना तसलो उजो; • **wildlife (n)** रानांतले सगळे प्राणी.

wilderness (n) अरण्य; रान; वाळवट; □ अज्ञातवास; □ घुसपागोंदळाची सुवात; □ चांचाळ; च्यावच्याव.

wile (n) कपट; कावो; हिकमत; • **(v)** फुसलावन; नादाक लावप.

wilful (adj) इराद्याचो; हेतूचो; □ परिणाम जाणा जाल्लो; मुजरत केल्लो; □ हटी; आपल्याच वाद्याचो; □ (भुरगो) आपसुलाद.

will (n) मृत्यूपत्र; मरणपत्र; इत्सापत्र; □ इत्सा; संकल्प; खोशी; • **will-power (n)** इत्सा-शक्त; संकल्प-शक्त; मनोनिग्रह; मनोबळ.

willing (adj) तत्पर; राजी; मान्य; तयारी आशिल्लो; • **willingness (n)** तयारी; तत्परताय; खोस; मान्यताय.

willow (n) एक झाड; दुफळ; न्हंयचे, दर्याचे देगेर जावपी चिवट लाकडाचें एक झाड; (हाच्या वेळांच्यो तरेकवार वस्तू करतात); • **willowy (adj)** बारीक आनी जाय तशें बागोवं येता अशें (वेळ); □ एकशिवड; लवचीक.

willy-nilly (adv) मनांत आसतना वा नासतना; फाटीं फुडें येवन; अनमनत (तयार जावप).

wilt (v) (झाड) उदकाविणें सुकप; वळपप; बावप; □ निस्तेज पडप.

wily (adj) धूर्त; ठक; नाडगो; तड्डकी.

win (v) जैत जोडप; येस जोडप; जिखप; (सोर्त) लागप; □ आपलेवटेन ओडप; आकर्शीत करप; (इश्ट) करप.

wince (v) आंखडप; आंवळून येवप; आंग चोरप; फाटीं सरप; कच्च जावप; कांचवेवप; • **(n)** कांपेरो; भंय; दुगदूग.

winch (n) जड वस्त वयर काडपाचें साधन; गडगडो; यारी.

wind (n) वारें; वारो; वाय; फूक; □ सुलूस; सुनशा; □ (बदलाचें, क्रांतीचें) वारें; • **(v)** कवळप; रेवडावप; बागोवप; □ घडयाळीक बी चावी दिवप; • **on wind (adj)** उबंत; वाऱ्यार; • **windbag (n)**

भातो (उजो फुकपाचो); • **windfall (n)** वाऱ्यान झडिल्लें फळ; अचकीत जाल्लो लाब, मेळिल्लें येरांस, येणावळ बी; म्हावरें; • **windmill (n)** पवनचक्की; • **wind up (v)** (वेपार बी) बंद करप; कवळप; • **windpipe (n)** सकनळी; ताळ्या-नळी; • **windy (adj)** वादळी; मोडाचो.

window (n) जनेल; जंगी; • **window protector (n)** पाखाटी; • **window pane (n)** जनेलाचे दार; आदरू; शो-रुमांत हारशाभितर वस्तू मांडपाची फळी.

wine (n) (धों) वायन; फळांपासून काडिल्लो मागे; • **wine-cellar (n)** मोगे दवरपाची कोठी; कोठयेंत दवरलेलो सोरो.

wing (n) शेवण्याचे पांख; □ विमानाचो पखो; □ इमारतीची अदिकतराची बांदावळ; कक्ष; □ सैन्याचो पगड; • **wings (n)** माचयेकुशींतल्यो तरफो.

wink (v) दोळो मारप; दोळ्यानी कुरु करप; दोळे पिटपिटावप; • **(n)** खीण; □ झेम.

winner (n) जैतवंत (व्यक्ती, पंगड, राष्ट्र बी); येस जोडपी.

winnow (v) धान्याक वारो दिवप; पोल फापडप; आसडप; पाखडप.

winsome (adj) ओडलायणो; भुलयणो; मोहक.

winter (n) शियाळो; शियाचे, थंडेचे दीस.

wipe (v) फाळो बी भोंवडावन निवळ करप, पुसप; (दुका) पुसप; • **wiper (n)** पुसपाचो फाळो; मोटारीचो मुखावयलो हारसो पुसपी पट्टी; • **wipe out (v)** सामको पुसून उडोवप; (उगडास) पुसप; नासो करप; (शत्रुच्या दुस्मानाक) कावार करप.

wire (n) (धो) वायर; सरी; तार; तंतू; □ पोस्टाची तार; तेलेग्राम; • **(v)** तार करप; □ विजेची तार लावप, बसोवप; • **wiring (n)** (धो) वायरींग; विजेची सरी लावपाचें काम; • **wireless (n)** सरी वा तारेचो वापर करिनासतना धाडिल्लो संदेश; रेडियो संदेश; बिनतारी संदेश; • **wiry (adj)** सरयेभाशेन कुटकुटीत; कडक; घटमूट.

wisdom (n) बुदवंतकाय; अक्कल; शाणपण; गिन्यान; जाणवाय; समजिकाय.

wise (adj) बुदवंत; शाणो; गिन्यानी; अणभवी; समजिकावेचो; • **(adv)** संदर्भांत; नदरेन (विचार केल्यार).

wish (n) इत्सा; अपेक्षा; खोशी; मनांतली ओड; हावेस; प्रार्थना; मागणें; • **(v)** मागप; मागणें करप; इत्सा करप; हावेस बाळगप.

wishful (adj) आशेचो; अपेक्षेचो; अपेक्षा धरून केल्लो; मनोराज्यांतलो; □ वाऱ्यावयलें (चिंतप).

wisp (n) तणाचो चुडो; केंसांचे गुठ्ळें.

wistful (adj) आशेभगत; आधाशी; अतृप्त.

wit (n) अक्कल; बुदवंतकाय; विनोदी वृत्ती; हजरजबाबीपण; • **witty (adj)** चुरचुरीत उलोवपी; विनोदी उलोवपी; हजरजबाबी.

witch (n) करणी करपी बायल; घाडीण; लाव; चेटकीण; • **witchcraft (n)** करणी; फितीस; जादू.

withdraw (v) फाटीं सरप, घेवप, काडप; आंग काडप.

wither (v) बावप; मिरयो पडप; सुकून वचप; करपप; ना जावप.

withhold (v) आडावप; आडावन दवरप; दिनासतना दवरप.

without (prep) बगर; सोडून.

withstand (v) सोंसप; (वारें-वत) सहन करप; पेलप; कठीण परिस्थितींत घट रावप.
witness (n) (व्यक्ती) गवाय; साक्षी; दोळ्यांदेखतीं पळोवपी; साक्ष; गवाय; • (v) प्रसंग घडटना पळोवप; गवाय दिवप.
wizard (n) जादुगार; □ कंवटाळी; घाडी.
wizened (adj) सुकिल्लो; बाविल्लो; वळपल्लो.
wobble (v) लकलकत वचप.
woe (n) खर दुखव; पिडा; कश्ट; • **woes** (n) दगदग; उतळताप; मनस्ताप.
wolf (n) कोलसुणो; सुणेंवागूट; येवूल; लांडगो.
woman (n) बायलमनीस; अस्तुरी.
womb (n) कुसवो; गर्भाशय; उदर.
wonder (n) नवल; अजाप; अचर्य; • (v) अजापांत पडप; अजापान येवजप; • **wonderful** (adj) नवलाचो; अजापाचो; अपरूप; सुंदर.
woo (v) (आपणाक बायल म्हणून मेळची हे नदरेन) प्रयत्न करप; □ पोटतिडकेन वावरप; □ गळवज्ञा येवप.
wood (n) लाकूड; मदेर; जळव; • **woods** (n) जंगल; रान; वन; • **woodcraft** (n) लाकडाच्यो तरेकवार कलावस्तू; □ रानांत रावपाची जाणकारी (रानाचो अभ्यास करपाखातीर बी); • **woodcut** (n) लाकूड कोरांतून केल्ली वस्त; शिक्को; छाप; • **woodcutter** (n) लाकूडमारो; रान सवकाळपी; • **wooden** (adj) लाकडी; लाकडाचो; • **wooden beater** (n) पेटणें; • **wooden shed** (n) भंगसाळ; • **woodpecker** (n) एक शेवणें (मेस्त); • **woodwork** (n) लाकडा-काम; लाकडा-वस्तू.
wool (n) लां; लोंकर; • **woollen** (adj) लांचो, लोंकरीचो (स्वेटर बी); • **woolens** (n) लांचे कपडे.
word (n) उतर; शब्द; □ वचन; उतर; भास; □ आवाज; नाद; □ कळोवणी; निरोप; सांगणी; □ फर्मावणी; आज्ञा; □ • (v) उतरांनी परगटावप, मांडप; • **bad word** (n) गाळ; • **wording** (n) उतरांची मांडणी; उतरां; • **word bound** (adj) उतरान बांदिल्लो; वचनबद्ध; • **wordy** (adj) पाल्लाळीक; भरभराचो; उतरांनी सुमाराभायर वाडयल्लो.
work (n) करणी; काम; वावर; वृत्ती; कृती; □ चाकरी; नोकरी; □ (जोडीपासत) वावर, कश्ट; □ साहित्यिकाचो, कलाकाराचो वावर; • (v) वावर, काम करप; □ लागू पडप; परिणाम जावप, घडून येवप; □ यत्न करप; चलोवप; • **workable** (adj) कामा येत असो; (वेव्हारांत) चलसारको; उपेगाचो; • **workbook** (n) विद्यार्थ्यांची अभ्यासाची पटी; • **work-force** (n) कारखान्यांतले एकंदर कामगार; मनीसबळ; • **worker** (n) कामगार कामदार; वावराडो; वावराडी; मानाय; कामेरी; • **working committee** (n) वावुरपी समिती; कार्यकारिणी; • **workman** (n) कुशळ कामगार; कारागीर; • **workmanship** (n) कसब; कारागिरी; कामांतली फिशालकाय; • **workshop** (n) (घो) वर्कशॉप; ल्हान कारखानो; जंय यंत्र दवरतात ती कोठी; □ कृतीसत्र; शिकोवपाचो कांय दिसांचो वर्ग; (प्रात्यक्षिकांसयत) कृतीसत्र.
world (n) विश्व; पृथ्वी आनी आकाश; □ धर्तरी; प्रिथुम; सृश्ट; पृथ्वी; □ जणेकल्याचो संवसार; • **worldly** (adj) संवसारीक; प्रपंचीक; ऐहीक; भौतीक.
worm (n) कीड; किडो; दंत, गांयडोळ

बी.

worn out (adj) वापरून झरिल्लो; कट्टर जाल्लो; फटकूर जाल्लो.

worry (v) हुसको, चिंता काडप; हुसकेवप; (मनांत) चिंतेन जळप; • **(n)** चिंता; हुसको; दुगदुग; भार; कांच; कोरांतणी.

worse (adj) सामको वायट; पाड; • **worsen (v)** इबाडत वचप; (पिडा रोग) जडायेर पडप; • **worst (adj)** वायटांत वायट; (परिस्थिती) सामकी बाद.

worship (n) भक्ती; पुजा; भजन; आराधना; □ देवकारें; देवस्पण.

worsted (n) लांचो उंची धागो; असल्या धाग्यांचें लुगट.

worth (n) मोल; योग्यताय; पात्रताय; गूण; कळ्ळीक; □ (केल्ल्या वावरांचें, मोडिल्ल्या पयशांचें) चीज; सार्थक; • **(adj)** मोलाचो; फावोसो; योग्यतायेचो; • **worthless (adj)** मोल नाशिल्लो; किकोत; नालायक; बाबत; फूंच; निकामी; • **worthy (adj)** पात्र; योग्यतायेचो; फावोसो; मोलादीक; लायकी आशिल्लो.

wound (n) घाय; फाड; चवन; □ दूख; □ **(v)** दुखोवप; घाय करप.

wrangle (n) आड्डून केल्लें झगडें; • **(v)** झगडप.

wrap (v) गुठलावप; रेवडावप; घांपप; पांगरूण घालप; वेश्टप; • **wrapper (n)** (घो) रॅपर; गुठलावपाचें साधन (कागद, लुगट बी); वेश्टण.

wrath (n) तिडक; भिरभिरी; राग; संताप.

wreak (v) (दुस्मानाचो सूड) घेवप; (खटी) मोडप; (राग) परगटावप; (लुसकान, इबाड) पडोवन हाडप.

wreath (n) फुलांची फांती; फुलां-पानांचें तोरण; □ पुष्पचक्र; □ धुंवराची मुदी, चक्र; • **wreathe (v)** वेश्टप; वेंगावप; □ फांती करप; पुष्पचक्र करप.

wreck (n) (तारवाची आपट्टून बी) मोड-फोड; विद्वाट; • **(v)** फोडून उडोवप; विध्वंस करप; • **wreckage (n)** विध्वंसाउपरांत उरता तें (फुटिल्लें तारूं बी).

wren (n) एक गोड गायन करपी येवरोपी शेवर्णे.

wrench (v) हिसडो, धपको मारून ओडप; पिवळप; पिवळून पिंजप; • **(n)** गावी; पक्कड; □ (दुस्ख दिवपी) ताटातूट; वियोग.

wrest (v) आपल्या हिताक वा मताक जुळपाखातीर मूळ गजाल वांकडी करप; अर्थाचो अनर्थ करप; □ दुस्मानाचें शस्त्र बी ओडून काडप; जैत झोंपून घेवप; विरोधकाचो जबरदस्तीन हयकार मेळोवप.

wrestle (v) आंगार झुडप; खुस्ती खेळप; प्रयत्न करप; • **(n)** खुस्ती; कठीण संघर्श.

wretch (n) दळडिरो, दुर्भागी मनीस; काकूटवाणी उणाक व्यक्ती; • **wretched (adj)** दुस्खी; दळडिरो; लाचार; दीन; □ विटयणो.

wriggle (v) किड्यांचें बी उळउळत फुडें वचप.

wring (v) ओलीं पिळप; □ पिळून अर्क काडप; • **(n)** पिळपाचें यंत्र.

wrinkle (n) मिरी; दोड; सुरकुती.

wrist (n) मनगट; (खमसाचो बी) कफ; • **wristlet (n)** मनगटाचो पटो; कांकण; वाळो; कडें; □ हातकडी; • **wrist-watch (n)** (मनगटाची) घड्याळ.

writ (n) राजाची, कोर्टाची फर्मावणी; • **writ (of) petition (n)** (घो) रीट पिटीशन; उच्च न्यायालयाकडेन केल्ली याचिका.

write (v) बरोवप; • **write off** (v) बरयल्लें पुसप; नोंद काडून उडोवप; रीण माफ करप; • **writer** (n) बरोवपी लेखक; साहित्यीक; • **writings** (n) लेखकाचें साहित्य; बरपावळ.

writhe (v) दुख्खान भुंयेर लोळप; दुख्खान तळमळप; वळवळप.

wrong (adj) चूक; बरोबर न्हय असो; नितींत बसनाशिल्लो; कामा येना असो; • (n) चूक; वांकडी करणी; अन्याय; गुन्हाव; पातक; अपराध; • **wrongful** (adj) अन्यायाचो; अनितीचो; कायदो मोडून केल्लो; • **wrongfully,** (adv) चुकीन; अन्यायान.

wry (adj) वांकडो जाल्लो; पेंचिल्ली (वाळू); □ (संवसाराक बी) विटिल्लो; त्राशिल्लो; निर्शेल्लो; □ उपरोधी.



X x

X x रोमी अक्षरमाळेचें चोविसावें अक्षर.

Xanthippe (n) सॉक्रेटिसाचे बायलेचें नांव (कर्कशा, कैदाशीण, झगडाळ बायलमनीस ह्या अर्थान वापरतात).

xenomania (n) परदेसी वस्तूंचें पिशें, नाद.

xenophobia (n) परदेसी वा भायल्या मनशांविशीं नावड, घृणा, कांच.

Xerox (n) झेरॉक्स कंपनीचें रजिस्टर्ड नांव (फोटोकॉपी, फोटोकॉपी यंत्र ह्या अर्थान वापरतात); • (v) झेरॉक्स करप.

X'mas (n) (Christmas चो संक्षेप) नातलाची, ख्रिसमसची परब; क्रिस्तजयंती.

x-rays (n) (घो) एक्स रे; क्ष-किरणां; अखंड वस्तू भेदून फोटो काडपी किरणां (अदीक करून कुडीच्या भागांचे).

xylograph (n) लाकडार कोरांतिल्लें चित्र.

xylophone (n) (घो) झायलोफोन; एक वाद्य.

xyster (n) हाडां खंवडपाचें आवत.

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
6550

Y y

Y y रोमी अक्षरमाळेचें पंचविसावें अक्षर.

yatch (n) भोंवडेचें होडें; सर्तींत वांटो घेवचेलें होडें.

yak (n) (घो) याक; तिबेटांतली लांब केंसांची वनगाय; बैल.

yam (n) उकडून खावचेली आफ्रिकेंतली एक मुळी, कणंग.

yank (v) नेटान अचकीत ओडप; • **(n)** झोपय.

yap (v) मुण्यान कूंय कूंय करप; □ पिशाभाशेन बडबडत रावप; • **(n)** मुण्याची रड; □ पिशाची बडबड.

yard (n) (घो) यार्ड; वार; तीन फूट लांबाय; 0.9144 मीटर लांबाय; □ खळें; आंगण; □ व्यापार-वेव्हाराची खाशेली सुवात (मार्केट यार्ड); • **yardstick (n)** वार; लुगट मेजपाचें माप; □ तुळा करपाचें साधन.

yarn (n) विणपाचें सूत; □ लांब अद्भूत काणी.

yaw (v) मार्ग सोडून तत्पुरतें आडवाटेन वचप; तारूं भरकटत वचप.

yawn (v) जांबय दिवप; गिळपाखातीर आं करप; • **(n)** जांबय.

year (n) बारा म्हयन्यांचो काळ; वर्स; संवत्सर; सन; □ पिराय; □ शिक्षणाचें वर्स बी; • **yearly (adj)** दर वर्सा घडपी, येवपी, जावपी; वर्सावळीचो; वर्सुको; • **(adv)** सालाबादप्रमाण; वर्सानवर्स; दर वर्सा.

yearn (v) आशेवप; लालेवप; □ अपुर्बायेन, मोगान काळीज भरून येवप; जीव कंठाकडेन पावप (मोगान); उत्फरके लागप.

yeast (n) बीयर करतना, पावाचें पीठ मळटना फुलपाक भितर घालपाचो एक पदार्थ; किण्व.

yell (v) बोब मारप; किळांच, हुयेल मारप; □ खोशयेन आलेट मारप; • **(n)** किळांच, हुयेल, बोब; राखण्यांच्यो कुयो बी; खेळगड्यांच्यो आलेटी.

yellow (adj) हळडुवो; • **(n)** हळडुवो रंग.

yelp (v) दुखीची बादा जातकूच सुण्याचें किळांचप.

yen (n) जपान देसाचें चलन.

yeoman (n) जाचेकडेन कसपाक खासा आपली भूंय आसा असो शेतकार; □ **yeoman('s) service (n)** मोलादीक वावर.

yesman (n) 'हय सायबा' करून जियेवपी; लेंग लेंग करपी; होयबा.

yester (pref) आदलो; फाटलो; कालचो; • **yesterday (n)** काल; आयच्या आदलो दीस.

yet (adv) तेभायर; अजून मेरेन; तरी आसतना.

yield (v) फळ दिवप; उत्पन्न दिवप; □ मनांत नासून, परिस्थितीक लागून हय म्हणप; मोहाक बळी पडप; तायर्णेत पडप; • **(n)** उत्पन्न; फळ; येणावळ; आदाव.

yoke (n) जूं; खोडो; जोत; □ जूं खांदार येतिल्ली बैलांची जोडी; □ भार; वजन.

yolk (n) तांतयांतलो हळडुवो बोळ; मुदव; कुल्लेची लाख.

yonder (adv) थंय; पयस; पेल्यान; दुसरे वाटेन; ते दिशेन.

yore (n) फाटलो काळ; पुर्विल्लो काळ; • **(adv)** खूप पयलीं.

young (adj) तरणो; तरूण; वयावयलो; □ हालींचो; • **(n)** जुवान; तरणाटो; भुरगो; □ पील; पिलो; • **youngster (n)** भुरगो.

youth (n) तरणेपण; पंदरा तीं वीस वसां पिरायेचो भुरगो; □ तरणी पिळगी.

yule (n) नातलाचो मोसम.

yummy (adj) रुचीक; सुवादीक; • **(int)** बेस बरें!

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No : 002867
WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
655

Z z

Z z रोमी अक्षरमाळेचें सव्विसावें, निमणें अक्षर.

zany (adj) हांसयणो; फकाणी; खेबडी; केलदावण्यो करपी; □ अरवळ; चक्रम; □ एंडो; बोंडो.

zeal (n) उर्बा; तवको; पोटतिडक; उमळशीक; (कितेंय उमेदीन करचेलो) नेट.

zealot (adj) (तत्वाचे बाबतींत) अतिरेकी, वादी; □ कट्टरपंथी; धर्मकोल्ली.

zealous (adj) उर्बेवंत; उपाट उमेदी.

zebra (n) (घो) झेब्रा; घोड्याभाशेन एक आफ्रिकन जनावर (हाच्या काळ्या आंगार धवे पटे आसतात); • **zebra crossing (n)** वाटसुरांपासत मार्ग बालांडूंक केल्ली काळ्या-धव्या पट्यांची वाट, शीर.

zenith (n) सामकी ऊंचांत ऊंच सुवात; ऊंचेलें तेमूक; माथ्यावयलो मळबाचो बिंदु; ध्येय-शिखर.

zephyr (n) वाऱ्याचो ल्हव-पीक झोत; □ नाजूक मोव आंगलें (लांचें बी).

zero (n) संख्या कांय ना अशें दाखोवपी ही फुरू ०; शून्य; पुज्य; □ नगण्य व्यक्ती; • **zero hour (n)** म्हत्वाच्या वावराच्या म्हुर्ताची वेळ; □ फौजेन हल्लो करपाचो खीण; (संसदेंत बी) प्रस्नोत्तरा वरा उपरांतचो काळ.

zest (n) रसणाय; जीवसाण; गोडी.

zigzag (adj) (रस्तो) वांकडो-तिकडो; मोडणां-मोडणांचो; □ झिगझॅग (शिवण).

zinc (n) (घो) झींक; एक धातू; जस्त.

zing (n) कैफ; मस्ती; वड; तुतनायक.

zip (n) (घो) झीप; □ कांय देसांनी पोस्टल सर्कलाचो नंबर; • **zip fastner (n)** (घो) झीप फासनर; झिपर.

zither (n) सतारीभाशेन एक वाद्य (तीस-चाळीस सरयांचें).

zodiac (n) बारा राशींचें चक्र, मंडळ.

zone (n) प्रदेशाचो विभाग (अस्तंत, उदेंत बी); □ खाशेल्या कामाक, कारणान राखिल्ली सुवात (गाडयो दवरूंक, हॉर्न वाजयना जावंक बी); □ तापीप्रमाण पृथ्वीच्या पांच वांट्यांतलो एक वांटो.

zoo (n) प्राणी संग्रहालय; जनावरांची बाग.

zoology (n) प्राणीविज्ञान; प्राणीशास्त्र.

zoom (n) विमानाचो आवाज; उड्डाण; उडंग; • **(v)** झूं ऽऽ करून नेटान वचप; उड्डाण मारप.

1 ते 100 आंकडे

एक	एकवीस	एकेचाळीस	एकसठ	एक्यांयशीं
दोन	बावीस	बावेचाळीस	बासठ	ब्यांयशीं
तीन	तेवीस	तेवेचाळीस	त्रेसठ	त्र्यांयशीं
चार	चोवीस	चवेचाळीस	चवसठ	चवद्यांयशीं
पांच	पंचवीस	पंचेचाळीस	पांसठ	पंच्यायशीं
स	सवीस	सवेचाळीस	सांसठ	शांयशीं
सात	सत्तावीस	सत्तेचाळीस	सातसठ	सत्यांयशीं
आठ	अठ्ठावीस	अठ्ठेचाळीस	आठसठ	अठ्ठ्यायशीं
	एकुणतीस	एकुणपन्नास	एकुणसत्तर	एकुणणवद
	तीस	पन्नास	सत्तर	णवद
एक	एकतीस	एकावन	एकात्तर	एक्याणव
	बत्तीस	बावन	ब्यात्तर	ब्याणव
	तेतीस	त्रेपन्न	त्र्यात्तर	त्र्याणव
चवदा	चवतीस	चवपन	चवद्यात्तर	चवद्याणव
पदरा	पस्तीस	पंचावन	पंच्यात्तर	पंच्याणव
गोळा	शत्तीस	शप्पन	शात्तर	शाणव
सतरा	सातीस	सत्तावन	सत्त्यात्तर	सत्याणव
अठरा	आठ्ठीस	अठ्ठावन	अठ्ठ्यात्तर	अठ्ठ्याणव
एकुणीस	एकुणचाळीस	एकुणसाठ	एकुणअंयशी	एक्याणव
वीस	चाळीस	साठ	अंयशीं	शंबर

655

(गोवा कोंकणी अकादेमीच्या 'कोंकणी शुद्धलेखनाचे नेम' वयल्यान)

B

WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE : English - Konkani
Dictionary

RLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

No. _____

Books lost, torn, defaced, marked or dam aged in any way shall have to be replaced by the borrower.

Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN

2867
Dic) Eng
KON
GUR